विश्व-कोंकणी साहित्य - 7

विश्व कोंकणी केंद्र
WORLD KONKANI CENTRE

विश्व कोंकणी परिचय कोश

ENCYCLOPEDIA OF KONKANI

खंड पयलो

अ ते कू

मुखेल संपादक
डॉ. तानाजी हळर्णकार

कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिष्ठान
मंगळूर

विश्व कोंकणी परिचय कोश

खंड पयलो

(अ ते कू)

मुखेल संपादक
डॉ. तानाजी हळर्णकार

कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतीष्ठान
मंगळुर - कर्नाटक

विश्व कोंकणी परिचय कोश
खंड–१

Vishwa Konkani Parichaya, Kosha
vol-1

© कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतीष्ठान

© Konkani Bhas ani Sanskriti pratisthan

उजवाडावपी :
कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतीष्ठान
विश्व कोंकणी केंद्र,
'कोंकणी गांव', शक्तीनगर,
मंगळुर – ५७५०१६ – कर्नाटक

Publisher :
Konkani Bhas ani Sanskriti Pratisthan
Vishwa Konkani Centre
Konkani Gaunva, Shakti Nagar,
Manglore - 575016 - Karnatak

छापपी :
रुतु ऑफसेट
वळवय, फोंडें – गोंय

Printer :
Rutu Offset
Volvoi, Ponda - Goa

पयली आवृत्ती : २०११

First Edition : 2011

सवलतिचें मोल : **रु. २००/–**

Concessional Price : **Rs. 200/-**

ह्या कोशाक भारत सरकारच्या केंद्रीय भारतीय भाशा संस्थान – म्हैसूर हे संस्थेचो आर्थीक पालव मेळला.
मान्यताय कळोवणी क्र. F-39-4 (3)/2006-07/FAVO/GRNT. तारीख : २३ मार्च २००७

विश्व कोंकणी परिचय कोश

खंड – पयलो

(अ ते कू)

मुखेल संपादक :

डॉ. तानाजी हळर्णकार

प्रादेशीक संपादक मंडळ :

एम्. माधव पै – शिमोगा

डॉ. जयवंत नायक – मंगळूर

डॉ. गीता शणै – बेंगळूर

डॉ. सुनिता बाय – कोची

श्री. जे. बी. मोरायस – मुंबय

सल्लागार समिती

श्री. बस्ती वामन शणै

(अध्यक्ष, कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतीष्ठान)

डॉ. तानाजी हळर्णकार

(मुखेल संपादक, विश्व कोंकणी परिचय कोश)

गोकुळदास प्रभू – मंगळुर

डॉ. शिवराम कामत – कुमठा

संपादन सहाय्यक

कु. आरती बोरकार

श्रीमती वैशाली पागी

स्वागत

विश्व कोंकणी परिचय कोशाच्या पयल्या खंडाचें आमी स्वागत करतां.

कोंकण ही परशुमारम भूंय. ही भूंय पुराणकाळासावन खाशेली सुवात घेवंन आसा. कोंकणपट्टी हें भुगोलीक नांव धारण केल्ले हे भुंयेचो भुगोलीक विस्तार उत्तरेक दमण गंगा पासून दक्षीणेक कोची मेरेन, भारत देशाच्या पश्चीम किनार पट्टींत पसरला. पश्चमी घाटाचो सह्याद्री पर्वत आनी अरबी समुद्र हांचे मदलो हो प्रदेश निसर्गाचे मनभुलोवणे गिरेस्तकायेन नटला.

इतिहासीक, राजकीय उलथा-पालथींक लागून, कोंकणी समाज विंगड विंगड प्रदेशांनी शिंपडून गेल्ल्यान, सगळ्यां कोंकणी लोकांमदीं एकसुत्री संपर्क आनी संबंध उरूंक पावलो ना. अखील भारतीय कोंकणी परिशदेन १९३९ त हो संपर्क आनी संबंध कांय प्रमाणांत घडोवन हाडपाचो आपलेपरीय यत्न केलो आनी तिका तातूंत यशय आयलें. कोंकणिचें मूळ-पीठ आशिल्लें गोंय १९६१ त स्वतंत्र जालें, आनी कोंकणी भास आनी संस्कृताय हांकां एक चालना मेळली. विंगड विंगड प्रदेशांतल्या कोंकणी लोकांमदीं कोंकणी अस्मितायेची जागृताय निर्माण जाली. कोंकणी लोकांमदलो संपर्क - संबंध वाडलो.

हे परिस्थितींत, काळाची गरज कशी, कोंकणी समाजाची वळख, संसारभर, पाताळिल्ल्या कोंकणी लोकांक करून दिवपाचो विचार मुखार आयलो. विश्व कोंकणी परिचय कोश हो ते दिकेंतलो एक वाटचिरो म्हणूं येता. ह्या कोशांत कोंकणी भुगोल, इतिहास, संस्कृताय, भास, साहित्य, कला, रिती-रिवाज, सण-परबो, धार्मीक थळां, वेगवेगळ्या मळावयल्यो नामनेच्यो व्यक्ती, आदींची वळख करून दिल्या. कोंकणी संसाराची ही वळख जशी कोंकणी मनशाक फायद्याची जातली तशीच ती बिगर कोंकणी मनशाकय जातली. ते भायर, फुडाराचे कोंकणी पिळगे खातीर ती एक दायज जावंन उरतली.

कोश काम हें जशें म्हत्त्वाचें काम तितकेंच ते जोखमिचें आनी जापसालकिचें काम. तेखातीर संशोधनाची आवड आशिल्लो आनी आसन मांडी घालून उमेदीन काम करतलो जाय आसता. अशा मनशाचो सोद घेत घेत आमी कोंकणी विश्वकोशाचे मुखेल संपादक, गोंयचे डॉ. तानाजी हळर्णकार हांचेकडेन पावले. तांची विद्वत्ता, कोश कामाचो अणभव, तांची कोंकणीबद्दलची लागणूक आनी आंग मोडून काम करपाची पद्दत, आमकां खबर जाल्ल्यान आमी तांकां ह्या कोशाच्या संपादनाची जापसालकी घेवपाची विनंती केली. कोंकणीचें काम जाल्ल्यान ताणी आमची विनंती व्हड खोशयेन मानून गेतली. आमी डॉ. तानाजी हळर्णकार, हांचे विशेश उपकारी आसा.

ह्या तीन खंडी कोश प्रकल्प-निर्मितीक म्हैसुरच्या, भारत सरकाराच्या, केंद्रीय भारतीय भाशा संस्थानाचो आर्थीक पालव मेळिल्ल्यान, हो कोश प्रकल्प मार्गाक लागूंक पावलो. केंद्रीय भारतीय भाशा संस्थानचे आमी उपकारी आसा. श्री. रामदास कामत, उडुपी आनी राजहंस वितरण, पणजी - गोंयचे श्री. प्रभाकर भिडे हांच्या कोश प्रकाशनाच्या भरीव आर्थीक आदाराखातीर आमी तांचे उपकारी आसा. आमच्या ह्या दात्यांचे दानतीक लागून आमी ह्या कोशाचें मोल उणें दवरूंक शकले.

हांव कोशाचे मुखेल संपादक, संपादक मंडळाचे वांगडी, सल्लागार समितिचे वांगडी, संपादन सहाय्यक, नोंद लेखक, नोंद समीक्षक, रुतू ऑफसेटचे धनी श्री. हिरू नायक आनी छापणावळ संबंधीत हेर, हांचे उपकार मानतां.

श्री. बस्तीवामन शेणै
अध्यक्ष
कोंकणीभास आनी संस्कृती प्रतिष्ठान

वळख

विश्व कोंकणी परिचय कोश ह्या तीन खंडी कोशाचो, पयलो खंड उजवाडाक येता, ही समेस्त कोंकणी लोकांखातीर खोशेची गजाल आसा.

ह्या कोशांत, कोंकणी विश्वांतल्या गिन्यानावरवीं, कोंकणिचे प्रकृती-संस्कृतिची वळख घडोवपाचो आमी यत्न केला. कोश म्हणजे कोठी, वा भांडार. कोंकणी प्रकृती – संस्कृतिच्या दायजाची ही कोठी तुमचेखातीर उक्ती करतांना, आमकां आमच्या स्रमाचे सार्थक जाल्ल्याचें समादान मेळटा.

ह्या कोशांत, कोंकण वाठारांतले प्रकृती-संस्कृतिचो आस्पाव केला. उत्तरेक दमणगंगा आनी दक्षीणेक गंगावळी, हाचेमदलो वाठार हो ह्या कोशाचो आवाठ धरला. ह्या आवाठांतलो भुगोल, इतिहास, संस्कृताय, कला, समाज अशा कोंकणी प्रदेशाच्या साबार विशयांचो ह्या कोशांत आस्पाव केला.

कोश हें गिन्यानाचें भांडार म्हटलें तरी, ह्या भांडारांतल्या गिन्यान-धनाक एक आपसुखीच मर्यादा पडटा. गिन्यान ही अमर्याद वस्त. मुळ गिन्यानांत दिसपट्टी भर पडत आसता. एकेक विशय हो एका सबंध कोशाक लेगीत आटापाक येना असो. विश्व कोंकणी परिचय कोश हो भोव-विशयी कोश जाल्ल्यान, तीन खंडांनीं (देड हजार पानांनीं) सगळ्यां विशयांचें सगळें गिन्यान दिवप आमच्या हाताभायर उरता. तीन खंडांचे मर्यादि भितर जितलें चडांत चड दिवं येता तें दिवपाचो आमी आमचेपरीन प्रयास केला.

कोशाचे हे मर्यादिक लागून, नोंदिचो आंकडो थारावप आनी, तेयपरस थारायल्ल्या आंकड्याभितर नोंदिची निवड करप, हें काम खंयच्याय कोशकारा खातीर कसरतिचें काम जाता. नोंदिची संख्या तशी नोंदिची निवड करतांना, सगळ्यां विशयांक फाव सो वाव मेळ्ून, कोश – विशयामदीं सुमेळ सादूंक पावला म्हणपाची जतनाय घेवंची लागता. ह्या पयल्या खंडांत आस्पाविल्ल्या सुमार साडेपाचशीं नोंदींनी हो सुमेळ सादतांना आमकां जायत्यो तडजोडी स्विकारच्यो लागल्या. तरीय हो असो सुमेळ सादपांत आमकां बऱ्याच प्रमाणांत यश आयला हे सांगपाक आनंद जाता.

नोंदिचे निवडी इतकीच नोंदिचो विस्तार हीय एक कोशकाराखातीर परिक्षा आसता. विशयाचे व्याप्तीप्रमाण, नोंदिचो विस्तार थारता आसलो तरी, तीनखंडी कोशाचो वावर करतांना, इतकें स्वातंत्र्य कोशकाराक मेळना. विशयाची व्याप्ती केदीय आसली तरी कोशांच्या पानांची व्याप्ती थरिल्ली आशिल्ल्यान, दरेक विशयाची सगळ्याची सगळी उपलब्ध माहिति दिवपाचें कोशकाराक स्वातंत्र्य उरना. कोश संपादकाक कातर वापरचीच पडटा आनी, कांय वेळार, ही कातर मारची पडटा. अशा वेळार कोश संपादकाचो नाईलाज जाता. अर्दी-मर्दी आमचोय असो नाईलाज जाला.

अशें जरी आसलें, तरी आमी कांय खाशेल्यां नोंदी संदर्भांत थोडी मेकळीक घेतल्या. हो कोश कोंकणी प्रदेशाचो कोश जाल्ल्यान, दोन गजालिचें मुद्दाम भान दवरलां. एक गजाल म्हणजे कोंकणी प्रदेशाचेंच अशे जें कितें खाशेलेंपणा आसा, आनी जें हेरकडेन मेळना, अशा विशयां वयल्यां नोंदींक प्राधान्य दिलां.

देखीक गोंयची 'पायलट' ही भाडेपट्टीची मोटारसायकलिची येरादारी वेवस्था. गोयांत मोटारसायकली (पायलट) फाटल्यान मनशाक बसोवन, भाडें मारता. (भाड्यान येरादारी करता.) अशी येरादारी वेवस्था संसारांत खंयच ना अशें कळटा. गोयांत, दक्षीण गोयांत विशेश करून मडगांव शारांत, 'भाडेल' ही बायल – हमाल वेवस्था संसारांत आनीक खंय पळोवंक मेळना. तशेंच मुंबय शारांतली, जेवणाडब्यांची वितरण-वेवस्था. हीय अशीच एकमेव तिच्यापरी तीच अशी. अशा खाशेलेंपणांक ह्या कोशांत खाशेली सुवात दिवप जालां.

कोंकणी प्रदेशाच्यो ज्यो वस्ती आतां काळा भायऱ्यो जाल्ल्यान निरुपयोगी जावन गेल्या, तांची वळख फुडले पिळगेक करून दवरपाच्या उद्देशान अशा, चडांत चड वस्तींची माहिती दिल्या. देखीक : धोतर (पुडवें), कास – कापड, काश्टी अशे आदले भेस, 'आईसफ्रूट', 'आंबील' अशीं खाणां, 'अंकपटी', 'चित्रबोध', 'पाढे' अशीं शिक्षणीक साधनां, 'ताबुलफळें', 'कांगां', 'कोंयडो-बाल' हे खेळ, 'कसाय', 'काडो', 'खतो', 'काण्ण घालप', 'जळू लावप', 'खारें उदक न्हावप', 'कामीण लासप', 'फोंत घालप' हीं वखदां, 'उज्या इस्त्री', 'टायपरायटर', 'घाणो', 'लाठ' हें तंत्र गिन्यान. अशा खाशेल्यां विशयांक ह्या कोशांत खाशेली सुवात मेळल्या.

नोंदितल्या विशयाची सर्वसादारण माहिती दितांनाच, त्या विशयाचे खाशेलेंपणय मुद्दाम नोंद केलां. देखीक 'कालो' हे नोंदी अंतर्गत आयिल्ले 'चिखलकालो' हे उपनोंदीत चिखलकाल्याच्या वर्णना वांगडा, चिखलाचो भारतांतलो आनी भारता भायलो, प्रचलीत आशिल्लो वैजकी संदर्भ दिला. तेचवांगडा, चिखलकाल्यासारखोच परदेशांत जावपी 'टोमाट-गर उत्सवाची' माहितीय थंय जोडल्या.

दर एक वनस्पत वा, जनावर वा, सुकणें हांची शास्त्रीय माहिती दितानांच, तांचो सामाजीक, सांस्कृतीक, आर्थीक, वैजकी उपेग दिला. देखीक 'केळ' हे नोंदीखाला, केळिची शास्त्रीय माहिती दितांना, केळिच्या पानाचो धार्मीक संदर्भ, केळ्यां घडांची आंगवण जावपी केळ्यां जात्रा, केळ्यां हालवो हे खाण, तशेंच चलनी नोटींखातीर केळिच्या पात्यांपासून तयार केल्ल्या कागदाचो वापर अशी जादा माहिती दिल्या. 'कावळो' ही नोंदींत कावळ्यासंबंधी शास्त्रीय माहिती आनी कावळ्यासंबंधीं शकून – अपशकून, बालगितांतली कावळ्याची प्रतिमा, कावळ्याचे भाशेचो (काकभास) अन्वयार्थ काडपी संशोधनाची माहिती दिल्या.

कांय नोंदीखातीर, प्रदेशा गणीक, वेगवेगळीं उतरां घोळटात. देखीक 'कापडयो' ह्या उतराक कोळी, मावली, आठ पायांचो ही पर्यायी उतरां वापरांत आसात. अशो भोव उतरी नोंदी आसता तेन्ना, चड वापरांत आशिल्ल्या उतराखाला नोंद बरयल्या आनी हेर पर्यायी उतरां खाला पर्यायी संदर्भ दिला. 'कापड्यो' उतरा खाला नोंद बरयल्या. कोळी, मावली, आठ पायांचो ह्यां उतरां खाला – पळयात : कापडयो, हो पर्यायी

संदर्भ दिला. 'अळमें' उतरा खाला नोंद बरयल्या आनी 'आळांबो', 'भूंयसत्री' ह्यां पर्यायी उतरा खाला - पळयात : 'अळमें' म्हटलां.

कांय नोंदी एकमेकांक पुरक आसता. म्हणजे एके नोंदीखालची माहिती दुसरे नोंदी खालचे माहितीकडेन नातें दवरता वा, तिच्यांत भर घालता. अशा वेळार एकामेकांकडेन नातें दवरपी नोंदींचे अखेरेक, पुरक नोंद म्हणून, तिचेकडेन नातें दवरतले नोंदिचो उल्लेख केला. देखीक 'अंकपटी' नोंदिचे अखेरेक पुरक नोंद 'चित्रबोध' आनी 'चित्रबोध' नोंदिचे अखेरेक पुरक नोंद : 'अंकपटी' अशें वाचकांक मार्गदर्शन केला. तशेंच 'कंबळा' (कर्नाटकांतली रेड्यां-सर्त) हे नोंदीचे अखेरेक, पुरक नोंद : 'धिरयो' (गोंयचें पाड्यां झूज) आनी 'धिरयो' नोंदिचे अखेरक 'पुरक नोंद : 'कंबळा' अशें सुचीत केलां.

कांय व्यक्ती तांच्या पाळण्यांतल्या नावापरस ताणीं जोडिल्ल्या, नावान वा टोपण नावान चड वळखतात. अशा व्यक्तींच्यो नोंदी समाजात घोळटा त्या तांच्या नावान बरयल्या. देखीक कालदैरू लॉर्ना ही गायक कलाकार, 'लॉर्ना' ह्या नावान चड परिचित आसा. कुकळ्येंकार वैकुंठ हो सिनेमा - फोटो ग्राफर 'के. वैकुंठ' म्हणून लोकांक चड खबर आसा. ह्यो नोंदी लॉर्ना, के. वैकुंठ अशो कोशांत आयल्यात. तेच प्रमाण एन्. शिवदास (शिवादस नायक), एन्. दत्ता (दत्ता नार्वेकर), के. दत्ता (कोरगावकर दत्ता), केशवसुत (कृष्णाजी केशव दामले) अशो आयल्यात. तांच्या पाळण्यांतल्या नावाखाला पळयात : अमूक (टोपणनांव) असो पर्यायी संदर्भ दिला.

विश्व कोंकणी परिचयाचो चडसो भर कोंकणी समाजाचेर दवरलो आसलो तरी, कोंकणी प्रदेश हो ताचेखातीर आवाठ थारायल्ल्यान, ह्या आवाठांत, आस्पावपी मुखेल भुगोलीक, धार्मीक, उद्योगीक, इतिहासीक थळांचो - घटकांचोय ह्या कोशांत आस्पाव केला. तेचपरी ह्या वाठारांतल्यां वेंचीक नामनेच्या बिगर कोंकणी संस्थांक आनी व्यक्तींक ह्या कोशांत सुवात दिल्या. हीं थळां, हे घटक, ह्यो संस्था, व्यक्ती कोंकणी वा कोंकणी संदर्भांत नासल्यो तरीय तांचें योगदान कोंकण वाठारा संबंधीत आशिल्ल्यान, तांचो विचार करप अपरिहार्य जालां.

कोंकणी साहित्य प्रकार (कथा, कविता, कादंबरी, कोश-साहित्य, निबंध, नाटक, समिक्षा, प्रवासवर्णन, विज्ञान साहित्य, लोक साहित्य, आदी) तांच्या आद्यअक्षराक लागून तीन खंडांनीं शिंपडून वता. सगळे साहित्यप्रकार एकेच कडेन आसप वाचकाचे नदरेन सोयिचें जाता. म्हणून, सगळे कोंकणी साहित्य प्रकार, 'साहित्यः कोंकणी' हे नोंदीखाला, एकत्रीतपणान, तिसऱ्या खंडांत दवरल्या.

ह्याच कारणाक लागून, कोंकणी लेखकांची हेर भाशेंतली निर्मिती (इंग्लीश, कन्नड, पुर्तुगीज, मराठी, मल्ल्याळम, हिंदी, आदी) तिसऱ्या खंडांतल्या 'साहित्य : कोंकणी' नोंदीखालचे 'साहित्य : हेर भाशेंतलें' हे उपनोंदीखाला दिल्या.

अशें करपांत आनीक एक फायदो जालो. कोंकणी साहित्याकडेन संबंदीत, आशिल्ल्या 'संगीत - कोंकणी', 'सिनेमा - कोंकणी', 'शिक्षण : कोंकणी' ह्यां नोंदीक 'साहित्य : कोंकणी' नोंद तिसऱ्या खंडांत

लार्गी जाल्या. अशे तरेन कोंकणी साहित्य (सगळे प्रकार), कोंकणी संगीत, कोंकणी सिनेमा, कोंकणी शिक्षण आनी कोंकणी लेखकांचें हेर भाशेंतलें साहित्य, एकाच तिसऱ्या खंडांत एकठांय जालां. संदर्भ – सोय म्हणून वाचकांक हाचो फायदो जातलो.

नोंदिंचो क्रम देवनागरी वर्णमाळेच्या, बाराखडीच्या क्रमाक धरून दवरला. अनुस्वार अक्षरान सुरू जावपी नोंद अनुस्वार अक्षरान सुरू ना जावपी नोंदी पयलीं घेतल्या. सकयल दिल्ल्या 'अ' आनी 'क' बाराखडिच्या तक्त्याप्रमाण नोंदिंचो क्रम दवरला.

अं, अ, आं, आ, इं, इ, ईं, ई, उं, उ, ऊं, ऊ, एं, ए, ऐं, ऐ, ओं, ओ, औं, औ

कं, क, कां, का, किं, कि, कीं, की, कुं, कु, कूं, कू, कें, के, कैं, कै, कों, को, कौं, कौ

जोडाक्षरान सुरू जावपी नोंदिचो क्रम जोडक्षरांच्या क्रमापणान दवरला. जोडाक्षरांतल्या अर्ध्या अक्षराचो क्रम पुराय अक्षराच्या आदीं दवरला. देखीक : अवसर, अश्वगंध, अशोक, अस्नोडकार, अळमें आदी.

कोंकणीं भाशेंतलो कोंकणी विश्वाचें गिन्यान दिवपी हो पयलो वयलो कोश. कोंकणी ही विकसनशील भास जाल्ल्यान, कोंकणींत कोशकामाखातीर गरजेची अशी साधना–सामुग्री, मनीसबळ आनी अणभवी परंपरा उणीच आसा. फावशे यत्न करूनय, कोशाखातीर जाय ती माहिती जाणकारांकडल्यान उपलब्ध जावंक पावलिना. तेखातीर उपलब्ध आशिल्ल्या संदर्भ ग्रंथांचो आनी इंटरनेटसारख्या इलेक्ट्रोनीक माध्यमांचो आदार घेंवचो पडला. कोशाखातीर नोंदी बरयल्ल्या जाणकारांवांगडाच अशा संदर्भ ग्रंथाच्या आनी माध्यमांच्या निर्मात्यांचें रीण आमच्या माथ्यार आसा.

खंयचोय कोश तसो परीपूर्ण आसना. होय कोश परीपुर्ण ना हाची आमकां जाणीव आसा. अशे तरेचो कोश कोंकणीत आसचो हे भावनेंतल्यान आनी कोंकणीवयले लागणुकेंतल्यान फावशी कोशनिर्मिती यंत्रणा हाताकडेन नासतांना ह्या कोशाच्या कामाक आमी हात घातला. ताचो पयलो खंड पुराय जाला. ताचेसंबंधीं वाचकांनी आपलो अभिप्राय कळयल्यार, फुडल्या खंडांच्या वावरांत आमचेखातीर तें मार्गदर्शन थारतलें.

कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिष्ठान – मंगळुर, हे संस्थेन कोश संपादनाचें काम करपाची म्हाकां संद दिली म्हणून, हे संस्थेक आनी संस्थेचे अध्यक्ष श्री. बस्ती वामन शेणै हांकां देव बरें करूं.

तशेंच नोंद लेखक, समीक्षक, संपादक मंडळाचे वांगडी, सल्लागार मंडळाचे वांगडी, चित्रकार, छापणावळ करपी रुतु ऑफसेट तसेच संबंदीत व्यक्ती हांच्या मोलादीक योगदानाखातीर आमी तांचे उपकारी.

अक्षयतृतिया, दिनांक ६ मे २०११

डॉ. तानाजी हळर्णकार
(मुखेल संपादक)

अंक पटी : आकड्यांची पटी. अंकाची म्हणजे आंकड्यांची वळख करून दिवपी पुस्तिका. भुरग्यांक पुर्वप्राथमीक शिक्षण दिताना सगळ्यांत पयलीं अक्षरांची आनी आंकड्यांची वळख करून दिवप जाता. ल्हान पिरायेचे कुवतीक धरून, तशें ल्हान भुरग्याच्या मानस शास्त्राचो विचार करून ही वळख करची आसल्यान ती भुरग्यांच्या संवकळिच्या चित्रांतल्यान करप जाता. चित्रांच्या आधारान आंकड्यांची वळख, तांचें मेजप (बेरीज-वजाबाकी), गुणाकारी पद्धतीन तयार केल्ले पाढे अशी सोपी माहिती अंकपटयेत दिता. तिका 'अंकलिपीय' म्हणटात. अशीच अक्षरांची आनी उतरांची वळख दिता ते पटयेक चित्रबोध म्हणटात.

आंकड्यांची वळख दिवपाची पद्दत अशी आसता. एका खणांत एक आंकडो दाखयता. ताच्या मुखावयल्या खणांत त्या आंकड्याची संख्या दाखोवपी चित्र (शेवणें, फूल) आनी अक्षरी आंकडो दाखयता.

देखीक :

आंकडे बरोवप आनी ते सारखे बरोवप हाची रीत अंकपटयेंत दिता. तेखातीर तीन खणांचो वापर करता. वयल्या खणांत आंकडो दाखयता. मदल्या खणांत ह्या आकड्याची टिंबा - टिंबाची आकृती दाखयता. सकयलो खण रितो आसता. पयल्या खणांतलो आंकडो दुसऱ्या खणांतले आकृतीक धरून भुरग्यान चिरचो आसता. तो चिरून जालो म्हणटकीर मागीर कसलो आदार घेनासताना तिसऱ्या खणांत तो आकडो काडचो आसता. अशे तरेन पळोवन, चिरून आनी अभ्यास करून आंकडे बरोवपाची रीत अंकपटी दिता.

देखीक :	1	2	3
	1	2	3
	1	2	3

अंक पटयेंत आंकड्यांची गुणाकारी दाखोवपी पाढे दितात. सर्वसादारणपणान 'बे एके बे' (दोन एके दोन) (२x१=२) पासून 'तीस' धंय 'तिनशें' मेरेन (३०x१०=300) पाढे दिल्ले आसता.

देखीक : बे एके बे, बे दुणे चार, बे त्रीक 'स'

(२ x १ = २), (२ x २ = ४), (२ x ३ = ६),

बे चोक आठ, बे पंचे धा, बे सक बारा, बे सत्तें चौदा (2 x ४ = ८), (2 x ५ = १०), (2 x ६ = १२), (2 x ७ = १४), बे आठें सोळा, बे णवें अठरा, बे धंय वीस

(2 x ८ = १६), (2 x ९ = १८), (2 x १० = २०),

अशेच फुडलें तिनाचे पासून तिसाचे मेरेनचे पाढे अंकपटयेंत दिल्ले आसता. कांय अंकपटयांनीं पावकी (.।.), निमकी (.॥.), पाऊणकी (.।॥.), सवायकी (१।), दिडकी (१॥), अडेजकी (२॥), औंटकी (३॥) चेय पाढे दिल्लें आसता.

शिक्षणाचो एक वांटो म्हणून शिकयल्ले हे पाढे, शिक्षण सोंपल्या उप्रांतय, हिशोब करपाक वा तोंडी गुणाकार करपाक, उपेगी पडटाले. आतांच्यो कॅलक्युलेटर, मोबायल वा कम्प्यूटर सारक्यो सुविधा नासल्यो तेन्ना लोक पाढ्यांचेरच अवलंबून आसताले. आतांय, गांवगिऱ्या वाठारांनी, जाण्टेलोक पाढ्यांच्या आधारान हिशोब करता.

आदल्या काळांत शाळा सुटचे पयलीं सांजच्या

पारार, शाळेंतलीं भुरगीं, सामुदायीक रितीन उजळणी (श्रीगणेशा ते ज्ञ ज्ञामेरेन) आनी पाढे (बे ते तीस मेरेन) तोंडी म्हणटाले.

पुरक नोंद : चित्रबोध

– सं. मं.

अंकलिपी : पळयात : अंकपटी

अंजदीव जुंवो : कारवारच्या नैऋत्य दिकेक ८ कि. मी. अंतराचेर कर्नाटक राज्यांतलो एक जुंवो. अक्षांश १४० ४५'३०'' उत्तर आनी रेखांश ७६ ०६'४५'' उदेंत.

अंजदीव नांव कशें पडलें हांचेविशीं चार मतां आसात : १ 'आंजेंदीव' हें नांव अद्यद्वीप (अद्य = पुर्विल्लें, द्वीप = जुंवो) म्हळ्यार पुर्विल्लो जुंवो ह्या शब्दांवेल्यान पडलां. पुर्विल्लो जुंवो म्हणपाचें कारण म्हळ्यार तो जुंवो परशुराम कोकणाक पावचेंआदीं सावन अस्तित्वांत आशिल्लो.

२) 'अंजीदीप' म्हळ्यार पांच जुंवे ह्या उतरावेल्यान आयलां.

३) 'आंजेदीव' हें उत्तर 'अज्यद्वीप' म्हळ्यार 'तुपाचो जुंवो' ह्या उतरावेल्यान आयलां. ताका 'तुपाचो जुंवो' अशें म्हणपाचें कारण म्हळ्यार परशुरामांन एकदां घोड्याचो यज्ञ – याग केल्लो तेन्ना ताका तुपाची पुरवण ह्या जुंव्यावेल्यान जाल्ली.

४) तें नांव 'अज्यद्वीप' म्हळ्यार 'अंजादेवीचो जुंवो' हाचेंवेल्यान पडलें. थंयचे अजा देवीचें देवूळ अरब लोकांनी नश्ट करतकच अजा देवी अंकोला हांगा गेली.

उत्तर – दक्षीण लांबाय १ मैल आनी उदेंत – अस्तंत लांबाय १/६ मैल इतली आसा. ह्या जुंवाचे नैऋत्य आनी अस्तंतेकडले वाठार खडबडीत आनी फातरांचे आशिल्ल्यान सगळ्या तरेच्या गलबतांक आनी तारवांक धोक्याचो जावन आसा. उदेंतेच्या मध्याक सुमार २० फूट खोलायेचे खाडयेंत १,००० टनांमेरेनचीं गलबतां नांगरून दवरपाक मेळटात. दक्षिणेक आनी अस्तंतेक जावपी प्रचंड वादळवाऱ्यावेळार तारवांक हे खाडयेचो आलाशिरों मेळटा. आंजेदीव जुंव्यासांवन मुखेल भूंयप्रदेशाक



आदलो

3



आतांचो

जोडपी उदकामार्ग सगळ्या जहाजांक वचपाक सुरक्षीत आसा. हो उदकामार्ग सुमार ४२ फूट खोल आसून तातूंत खडपां आनी जलांतरीत प्रस्तर (Shoals) सापडटात. जुंव्याभोंवतणींची उदकाची खोलाय सुमार ७५ फूट आसा. पोर्तुगेजांनी गोंय काबीज करचेआदीं तांचीं जहाजां बांदप, तीं सारकीं करपाची सुवात आंजेदीव जुंव्यार आशिल्ली. १५१० वर्सा पोर्तुगीजांनी गोंय ताब्यांत घेतकच अंजद्वीप जुंव्याक व्हडलेशें म्हत्व दिलें ना.

ह्या जुंव्यांचेर चड करून वज्राचें आनी पाशाणाचे फातर सांपडटात. ह्या जुंव्याचो अस्तंतेकडलो दर्यावटेनचो भाग पडंग आनी फातरांचो आसा. पूण उदेंतेकडल्यान जमनीच्या भागांत कोको पामचीं झाडां तेचप्रमाण आंब्याचीं, पणसाचीं, आंतेराचीं, संत्राचीं, लिंबाचीं झाडां, किल्ल्यांचे मोडके अवशेश आनी दुरींग, कांय धवीं घरां आनी ऊंच ऊंच भिल्लमाडांच्या झाडांमदीं आशिल्ल्यो दोन सोबीत इगर्जी हाका लागून ह्या जुंव्याचो देखाव खूब सुंदर आनी ओडलायणो दिसता.

आंजेदीव जुंव्याचे उदेंतेक लोकवस्ती आसा. कोकोपामचीं रानां रोवन आनी नुस्तेमारीचो वेवसाय करून हांगाचे लोक आपली जीण चलयतात. व्हडा प्रमाणांत नुस्ते धरून सुकयतात आनी हेरकडेन धाडटात. ह्या जुंव्यार तांदूळ पिकना, म्हूण हेरकडल्यान हाडचो पडटा. उदका – पुरवण दोन तळ्यांवरवीं जाता. सुमार ३० फूट चौरस आशिल्लें एक तळें जुंव्याचें मदीं आसा. ताचें उदक भलायकेक अपायकारक आशिल्ल्यान पिवपाक वापरीनात. ह्या तळ्याचे अस्तंतेक २०० यार्ड अंतराचेर एक सैमीक वझरो वर्सभर व्हांवत आसता. त्या वझऱ्याचें उदक पिवपाक वापरतात.

वास्को–द–गामा, १४९८ वर्सा १७० मनशां–वांगडा ह्या जुंव्यार आयिल्लो आनी १५ दीस ताचो थंय मुक्काम आशिल्लो. १५०५ वर्सा पोर्तुगालचो पयलो व्हाइसरॉय दाँ फ्रांसिश्कु द आलमैदा हाणें १५०० मनीस ह्या जुंव्याचेर किल्लो बांदूंक धाडिल्ले. स म्हयन्यांभितर हो किल्लो बांदून जालो आनी मागीर ताका 'सां सेंबाश्तियांव' हें नांव दिलें.

पोर्तुगेज सरकारान व्हसरेय काँदि द आल्व्हॉर हाच्या अंमलांत १६८२ वर्सा आंजेदीव जुंव्यार एक किल्लो बांदलो तो किल्लो भारतांतल्या हेर पोर्तुगेज किल्ल्यां इतलोच सुंदर आशिल्लो. त्याच वर्सा संभाजी पोर्तुगेजांकडेन झगडलो आनी ताणें तो किल्लो घेवपाचो यत्न केलो. पूण जुलय म्हयन्यांत, वादळाचो मोसम जावचे आदीं गोंय सरकारान तांचे राखणेखातीर सैन्य धाडलें आनी मराठ्यांचो यत्न फळाक येवंक दिलो ना.

१७२० वर्सा हॅमिल्टन हाणें बरयल्लें – ''आंजेदीव हों पोर्तुगेजांचो जुंवो भटकळसावन दोन मैलांचेर आसून तो पोर्तुगेजांनी वेवस्थित तटबंदी करून दवरिल्लो कारण तो किल्लो मस्कतचे अरब आनी शिवाजीचे मराठा लोक केन्नाय काबीज करीत

ही धास्ती तांकां आशिल्ली.' १७५८ वर्सा, फ्रेंच अभ्यासक आंकेतील धु पॅराँ हाणेंय अशें बरयलां. ''आंजेदीव जुंवो पोर्तुगेजांच्या ताब्यांत आशिल्लो आनी तो तटबंदीत आशिल्लो. थंय तयार केल्ले सुती पांयमोजे बऱ्या पांवड्याचे आनी सवाय म्हूण भारतभर नांवाजिल्लें.'' गोंय आनी दीवच्या गुन्यावकारांक सक्तमजुरीची ख्यास्त दिवन ह्या जुंव्यार धाडटाले. तांकां बंदखणींत सूत कांतपाक आनी पांयमोजे विणपाक सांगताले. १९ डिसेंबर १९६१ च्या गोंय मुक्ती आदीं नोव्हेंबर १९६१ त आंजेदीव जुंव्यार भारतीय नौसेना आनी पोर्तुगेज नौसेना हांच्यामजगतीं खर झूज जाल्लें.

सध्याक आंजेदीव जुंव्याचो ताबो भारतीय नौसेनेच्या कारवारच्या सी बर्ड केंद्राकडेन आसा. संरक्षणाची जतनाय म्हणून ह्या जुंव्यार संरक्षण सेनेभायल्या व्यक्तीक प्रवेश दिवप जायना. हाकालागून जुंव्यार आशिल्ल्या नोस्स सिन्योर दस ब्रोतश (अवर लेडी ऑफ स्प्रिन्स) आनी सेंट फ्रांसिस द आस्सिसी हांच्या २ फेब्रुवारी आनी ४ ऑक्टोबर जावपी फेस्तांक वचपी भाविकांक २००४ पसून कारवार नौदल सेना केंद्रान प्रवेश बंदी घाल्या. ही बंदी काडची म्हणून भावीक आनी धर्मगुरू सरकाराक आनी नौसेनेच्या अधिकाऱ्यांक वेळोवेळ विनंती करीत आसात. लोकांची हीं धर्मस्थळां आशिल्ल्या कारणान आनी तातूंत तांची भावनीक गुंतवण जाल्ल्या कारणान थारावीक बंधनां भितर फेस्ताच्या दिसांनी भाविकांक प्रवेश दिवचो अशी तांची मागणी आसा. पूण दिसान दीस संरक्षणाचो प्रस्न गंभीर जाता जाल्ल्यान अशा संवेदनशील वाठारांत उक्तो प्रवेश दिवप धोक्याचें जावं येता असो नौसेना अधिकाऱ्यांचो दावो आसा.

– सं. मं.

अंजानवेळ (गोपाळ गड) : हो किल्लो कोकणांत, दाभोळ बंदरा मुखार, दोंगुल्लेचेर बांदला. ह्या किल्ल्याक दोन प्रवेशदारां आसात. ह्या किल्ल्याचें खाशेलेंपण म्हणजे ह्या किल्ल्याच्यो वण्टी पालशो आसून त्यो किल्ल्याच्या वयल्या भागासावन दर्यामेरेन आसात आनी तांचेर खूप बुरुज आसात.

हो किल्लो बहामनी राजान १६६० त बांदिल्लो. उप्रांत शिवाजी महाराज आनी १६८२ त संभाजीन ह्या किल्ल्याची आनीक वाड केली. फुडें खैरात खान १६९९ त हबशी आनी १७७४ त तुळाजी आंग्रे हाणेंय तातूंत भर घाली. किल्ल्याचे पुर्वेक दर्यावटेन ताळकेश्वराचें पुरातन देवूळ आनी १८८० त बांदिल्लो दीपस्तंभ आसा. किल्ल्याचें भोवतेक बांदकाम मोडलां पूण देवूळ आनी दीपस्तंभ उबे आसात.

मराठ्यांचे कारकिर्दींत, आंग्र्यांच्या काळांत ह्या किल्ल्याक व्हड म्हत्व प्राप्त जाल्लें. विशेश करून समुद्राच्या मुखेल प्रवाहापासून पयस आशिल्ल्यान सुरक्षीत जहाज – नांगरणिखातीर ह्या किल्ल्याचो चड वापर जाताले. १६९९ त खैरत खान हबशीन ह्या किल्ल्याचेर आपलो ताबो दवरलो. १७७४ त तुळाजी आंग्रे हाच्या अधिकाराखाला हो किल्लो आसलो.

– सं. मं.

अंकोला : कर्नाटक राज्याच्या उत्तर कन्नड जिल्ह्यांतलो, कारवार आनी कुमटा तालुक्यांमदलो एक तालुको. अंकोला पट्टण हें ह्या तालुक्याचें मुखेल थळ. 'अंकलेश्वर' ह्या प्राचीन देवस्थाना वयल्यान 'अंकोलां' हें नांव पडलें अशें कांय जाणाचें मत आसा. करावळी समुद्राचेर आसपी 'अंकोले' (Alangium lamarckii) ह्या रुखा वयल्यान हें नांव

आयलां असो उत्तर कन्नड जिल्लो गॅझेटियरांत उल्लेख आसा. ह्या वाठारांतले आदले 'अंकलि' नांवाचे राजनर्तकीवयल्यान 'अंकोला' हें नांव पडलां आसूं येता असोय एक तर्क आसा.

कारवार तालुक्याच्या दक्षीणेक ३२ किलोमिटराचेर आशिल्ल्या अंकोला तालुक्याचें क्षेत्रफळ ९१७.६ चौरस किलोमिटर आसा. ताचे अस्तंतेक अरबी समुद्र उदेंतेक शिरसी आनी यल्लापूर तालुको, उत्तरेक कारवार आनी यल्लापूर तालुको, दक्षीणेक कुमटा तालुको आसा. अंकोला शाराचें क्षेत्रफळ ७.४४ चौरस किलोमिटर आसा. इसवीसन १८०० पासून अंकोला हें तालुक्याचें थळ जावंन आसा. १८६२ त जेन्ना ब्रिटिशांनी कर्नाटक प्रदेशाचे उत्तर कन्नडा आनी दक्षीण कन्नडा म्हणून दोन विभाग केले, तेन्ना अंकोलाचो उत्तर कन्नडा भागांत आनी मुंबय प्रातांत आस्पाव जालो. भारत स्वतंत्र जातकीर, १९५६ स्थापन जाल्ल्या म्हैसूर राज्यांतलो अंकोला हो एक तालुको जालो.

देशाचे स्वातंत्र्य चळवळींतल्या 'करनिराकरण' सत्याग्रहांत (१९३१-३४) अंकोल्याच्या स्वातंत्र्यसैनिकानी आपलें व्हड योगदान दिलां. हाकाच लागून अंकोला तालुक्याक 'कर्नाटकाचे बार्डोली' म्हणून पाचारतात.

हांगा सौंदेकर राजान बांदिल्ल्या पोन्न्या किल्याचे अवशेश मेळटात. थंय एक मारुती मंदीरय आसा. ते भायर, श्री शांतादुर्गा, श्री लक्ष्मीनारायण महामाया, श्री आर्यदुर्गा, श्री व्यंकटरमण, श्री होन्नाराका हीं अंकोल्याचीं प्रसिद्ध देवस्थानां आसात. णव दीस चलपी 'भांडिपरब' हो हांगचो नामनेचो वर्सुकी उत्सव. हांगचो गणेशोत्सव हो एक असोच म्हत्वाचो उत्सव. गुमटेपांण, पूगडि, सु ग्गीनृत्य, यक्षगान आनी हेर जनपदाखातीर अंकोल्याची व्हड नामना आसा.

भात, कब्बु, अळसांदो, हुडीद, कुळीद अशे दोन दाबीचें कडधान्य हीं हांगचीं मुखेल पिकां. काजूगर आनी इशाढ प्रकारचो आंबो जगप्रसिद्ध आसा. शिंपया पासून चुनो करपाच्यो भट्ट्यो आनी नळे तशे विटो भाजपाचे हांगां कारखाने आसात. अंकोल्याचे नामनेचे कवी श्री. दिनकर देसाय हाणी १९५३ त स्थापन केल्ल्या 'वेल्फेर ट्रस्टांवतीन उत्तर कन्नड जिल्ल्यांत २९ शिक्षण संस्था चलतात. अंकोला हें हायवेचें रस्त्या-येरादारीचें ठिकाण आसून, कोंकण रेल्वे मार्गावयलें एक रेल्वे स्टेशन आसा. वेळंबार हांगा श्री बोम्म शिवु गौड घराण्या कडसून घडपी अर्धांग वाताचेर उपचार करपाची आयुर्वेदीक उपचार पद्दत प्रसिद्ध आसा.

– डॉ. शिवराम कामत

अंतरपाट : हिंदू समाजांत लग्नावेळार, न्हवरो आनी व्हंकल हांचेमदीं आडवें पसरिल्लें वस्त्र. न्हवऱ्या व्हंकलेच्या हातांत एकमेकांक घालपाखातीर फुलां माळ दिवन एकमेकांक फुडो करून उबीं करतात. तेच वेळार मंगळाश्टकां म्हणप चलता. लग्नाच्या म्हुर्ताची वेळ ये म्हणसर दोगांनीय एकमेकांक पळोवंचें न्ही म्हणून तांचे मदीं हें अंतरपाटाचें वस्त्र पसरून धरतात. लग्नाच्या म्हुर्ताची वेळ आयली म्हणटकीर हो अंतरपाट कुशीक काडून न्हवरो व्हंकलेक आनी व्हंकल नवऱ्याक फुलां माळ घालताना तांचें एकमेकांक पळोवप जाता. अंतरपाटाच्या वस्त्राचेर गंधान स्वस्तीक काडून त्या वस्त्राक धार्मीक अधिष्ठान दिता.

आदल्या काळांत लग्नाच्या म्हुर्ताची वेळ येवचे

आदीं न्हवऱ्या-व्हंकलेन एकमेकांकडेन उलोवप - पळोवप ना अशी रीत आसली. न्हवऱ्याक व्हंकलेची आनी व्हंकलेक न्हवऱ्याची निवड घरचींच करताली. लग्नाच्या म्हुर्ताचे वेळेपयलीं न्हवऱ्या-व्हंकलेचें मेळप उलोवप अशास्त्रीय मानताले. ताचे दुश्परिणाम फुडाराक न्हवऱ्या-व्हंकलेक भोगचे पडटले असो समज आसलो.

आयच्या काळांत न्हवऱ्या-व्हंकलेचें मेळप लग्ना आदींच जाता आसल्यान, लग्नावेळार पयल्या दर्शनाचो योग येना आसलो तरी धार्मीक/सांस्कृतीक विधी म्हणून असो अंतरपाट धरपाची प्रथा चालू उरल्या.

व्हडले दिवाळेक तुळशीच्या लग्नाकय तुळस आनी तुळशीचें लग्न लावपी यजमान हातांत पानां माळ घेवन उबो रावता तेन्ना, तांचेमदीं असोच अंतरपाट धरपाची चाल आसा. हांगाय मंगलाश्टकां म्हणून जातकीर, यजमान तुळशीक देव श्री विष्णूचे वतीन माळ घालताना, अंतरपाट पयस करतात.

लग्न लागपा वेळार जीं मंगलाश्टकां म्हणटात, तातुंतल्या सकयल दिल्ल्या मराठी मंगलाश्टकांत अंतरपाट आनी न्हवऱ्या-व्हंकलेन लग्न लागमेरेन एकमेकांक पळोवंक जायना हो संदर्भ आयला.

''आली लग्नघटी समीप नवरा घेऊनी यावा घरा'। गृह्योक्ते मधुपर्क पूजन करा अंत:पटाते (अंतरपाट) धरा । दृष्टादृष्ट वधूवरा (व्हंकल-न्हवरो) न करतां दोघे करावीं उभी । वाजंत्रे बहू गलबलान करणे। कुर्यात् सदा मंगलम्'' ।।

- सं. मं.

अंबर : पळयता : रुमड

अंबली : पळयात : आंबील

अंबारी वाहन : हतयाचे फाटीर बसपा खातीर केल्ली छपरी बसका आदल्या काळांत, आधुनीक वाहनांची सोय नासली तेन्ना, जनावरांचो वापर वाहनासारखो करप जातालो. जनावरांमदीं घोडो, हती आनी ऊंट हांचो चड वापर जातालो. घोडो वा ऊंट वा तत्सम जनावरांच्यो फाटी अशीर उरिल्ल्यान, तांचेर छपरी बसका दवरुंक मेळ नासल्यो. पूण हतयाची फाट अशी बसका दवरपा इतकी रूंद आशिल्ल्यान, हतयाचे फाटीर, ऐस - पैस बसपाची सोय, अंबारिंतल्यान जाताली. आदल्या काळांत राजे - लोक अशा अंबारिंतल्यान भोंवताले. शिकार करचे वेळार, झूज खेळचे वेळार, अशा कठीण प्रसंगांत अंबारिचें बरें संरक्षण मेळटाले. लग्न कार्याक वचूंक, वा हेर सामाजीक - धार्मीक उत्सवा वेळार राजे लोक अंबारिंतल्यान वताले. अंबारी हें सामाजीक तशें



राजकीय प्रतिश्टेचें वाहन समजप जातालें.

हिंदुंच्या भोवतेक देवळांनी, देवाची मिरवणूक काडटाना हेर वाहनावांगडा अंबारी वाहनाचो वापर जाता. जित्या हतयांचो वापर आतां लागीं लागीं सोपला आनी हतयाच्या आकाराची लाकडी प्रतिकृती तयार करून, तिका चक्रां लावन, दोरयेच्या आधारान अशी अंबारी देवळाच्या प्राकारांतल्यान ओडून व्हरप जाता.

– सं. मं.

(धी) अकादेमी ऑफ जनरल एज्युकेशन : कर्नाटक राज्यांतल्या मणिपाल शारांत, १९४२ वर्सा सुरू जाल्ली शिक्षणीक मळावयली एक भोव उद्देशी आनी अग्रणी संस्था. मणिपाल उद्योग आनी शिक्षण संकुलाचे प्रवर्तक आशिल्ल्या पै कुटुंबियांकडसून देशाक मेळिल्ली ही एक देणगी आसा. सुरवेच्या काळांत, थळाव्या उद्योग–धंद्यांक पुरक अशे अभ्यासक्रम, (बँकींग, मोटर इंजिनियरींग, प्रिंटींग, इन्सुरन्स, वैजकी सेवा, आदी.) सुरू करून, आयचे घडये वैजकी, अभियांत्रिकी, तंत्रगिन्यानी, आनी हेर साबार पांवड्यावयल्या विभागां वांगडाच प्राथमीक थरावयल्या शिक्षणाचें योगदान दिवपी ही अकादेमी एक म्हत्वाचें केंद्र जालां. हे अकादेमीच्या आसऱ्याखाला चलपी मुखेल संस्था अशो आसात.

१) महात्मा गांधी मेमोरियल कॉलेज : उडुपी –मणिपाल वाटेर १९४९ वर्सा सुरू केल्ल्या ह्या महाविद्यालयांत कला, विज्ञान आनी वाणिज्य फाटच्यांचे शिक्षण मेळटा. हांगा १९६५ त प्री. युनिवर्सिटी अभ्यासक्रम सुरू जालो. ह्या म्हाविद्यालयांतल्या विद्यार्थ्यांखातीर हांगा वसतीघर आनी एक सुसज्ज वाचप घर आसा.

२) कस्तुरबा मेडिकल कॉलेज – मणिपाल आनी मंगळूर : हें १९५३ त सुरू जाल्ले देशाचें पयलें खाजगी वैजकी महाविद्यालय आसा. ह्या महाविद्यालयांत शिकपी भुरग्यांच्या पालकांकडच्यान, सहकारी तत्त्वाचेर, शिक्षणाचो पुराय खर्च भागोवन घेवपाचो, हो एक अप्रुपाचो प्रयोग आसलो. सुर्वेक शंभरेक लागीच्यांक विद्यार्थ्यांक घेवन सुरू केल्ल्या ह्या महाविद्यालयांत उप्रांत तमिळनाडू, आंध्रप्रदेश, केरळ, महाराष्ट्र, गुजरात, उत्तर प्रदेश, पंजाब हांगच्या भारतीय विद्यार्थ्यांवांगडाच मलया, सिलोन, नेपाळ, आफ्रीका सारकिल्या विदेशी देशांतले विद्यार्थीय हांगां शिकूंक लागले. सद्याक मणिपाल आनी मंगळूर हांगा दोनयकडेन संसारभरचे विद्यार्थी शिकतात. दोनयकडेन दोन स्वतंत्र वैजकी महाविद्यालयां, हॉस्पीटलां, नर्सींग महाविद्यालयां कार्यरत आसा.

३) मणिपाल इंजनियरींग कॉलेज – मणिपाल : १९५७ त सुरू जाल्ल्या ह्या महाविद्यलयांत, कस्तुरबा मेडिकल कॉलेजीप्रमाणच हांगाय शिकपी भुरग्यांच्या आवयबापायकडल्यान दुडू घेवन ह्या सिक्षणाचो खर्च भागोवप जालें. १९५७ त सिवील इंजिनियरींग, १९७० त मॅकानिकल आनी १९६१ त इलेक्ट्रीकल इंजिनियरींगचे अभ्यासक्रम सुरू जाले. देशांतल्या सगळ्या वाठारांतले विद्यार्थी हांगा शिकप घेतात.

४) दी उडुपी लॉ कॉलेज – उडुपी : १९५७ त सुरू जाल्ल्या ह्या कायदो महाविद्यालयांत प्रिलिमिनरी आनी एल्. एल्. बी. च्या पयल्या वर्साच्या अभ्यासक्रमान सुरवात जाली. आता हें महाविद्यालय म्हणजे कायदो शिक्षणाचें एक नांवाजतें केंद्र जालां.

५) १९५८ त सुरू जाल्ल्या दि अकादेमी स्कूल ऑफ म्युजीक अँड फाईन आर्टस् हे उडुपी हांगा

सुरू केल्ले संस्थेवरवीं हिंदुस्थानी आनी कर्नाटकी संगीत आनी नाचाचे शास्त्रीय शिक्षण दिता. १९५९ त 'गृहिणी विद्यालय' आनी प्रौढ बायलांखातीर माध्यमीक शिक्षणाचे अभ्यासक्रम सुरू जाले. १९५९ त प्रौढ बायलांखातीर माध्यमीक शिक्षणाचे संकलीत अभ्यासक्रम सुरू जालो. १९६१ त 'दि पेर्डूर हायस्कूल' पेर्डुरांत सुरू जालें.

६) 'दी कस्तुरबा जनरल हॉस्पिटल – मणिपाल : १९५३ त मणिपालाक सुरू केल्ल्या कस्तुरबा मेडिकल कॉलेजी वेळार, तेन्नाच्या मद्रास सरकारान ह्या कॉलेजीखातीर लागपी शिक्षणाखातीर मंगळुरचे जिल्लो हॉस्पिटल दवरिल्लें. मागीर वैजकी शिक्षण आनी वैजकी सेवा एकेच कडेन उरची म्हणून १९६१ त 'दि कस्तुरबा जनरल हॉस्पिटल सुरू केलें. ह्या हॉस्पिटलाचो शिलान्यास तेन्नाची प्रधानमंत्री श्रीमती इंदिरा गांधी हिणें २६.११.१९५९ दिसा हिणें बसयल्लो. सद्याक हें हॉस्पिटल देशांतल्या प्रमूख हॉस्पिटलांतलें एक हॉस्पिटल आसा.

७) 'श्री भुवनेंद्र कॉलेज' कार्कळ – १९६०, 'भंडारकर कॉलेज ऑफ आर्टस् अँड सायन्स' कुंदापूर, 'विजय कॉलेज', मुल्की – १९६३ : ग्रामीण वाठारांतल्या भुरग्यांक उंचेल्या पावंड्यावयलें शिकप मेळचें ह्या उद्देशान, मंगळुरच्या शारापासून पयस आशिल्ल्या ह्या गांवांनी ह्यो शिक्षण संस्था सुरू केल्ल्यो. ह्या संस्थाचे उभारणेक थळाव्या लोकांचो बरो पालव मेळलो. कार्कळांतले भुवनेंद्र कॉलेजीक, कार्कळाच्या वेंकटरमण देवस्थानाकडसून १८ एकर जमीन सामक्या उण्या भाड्यान उपलब्ध जाली. कुंदापुरातल्या डॉ. ए. एस्. भंडारकार हाणें कुंदापुरच्या कॉलेजा खातीर तेवेळार दोन लक्ष रुपयांची देणगी दिल्ली. मुलकी गांवांतल्याय लोकांनी थंयची कॉलेज उभारपाक मजत केल्ली.

थळावे लोक आनी समविचारी संस्थांच्या सहकार्यान, अकादेमीन, वेगवेगळे शिक्षणीक, सांस्कृतीक आनी वेवसायीक उपक्रम हातांत घेवन कर्नाटकांत क्रांतीकारी वावर चलयला.

आतां मणिपालांतल्या शिक्षण – उपक्रमांच्या उदरगतीखातीर तशे तांचेमदीं समन्वय घडोवपाखातीर आनी नियंत्रण दवरपाखातीर मणिपाल युनिव्हर्सिटीची स्थापना जाल्या.

– डॉ. गीता शणै

अखिल कर्नाटक कोंकणी परिषद, बेंगळूर : कर्नाटकांतल्या कांय कोंकणी संस्थांक प्रतिनिधित्व आशिल्ली, सांघीक पद्दतिची कोंकणी संस्था. हे संस्थेचेर कोंकणी भाषा मंडळ – बेंगळूर, कोंकणी भाषा मंडळ – म्हैसूर, कोंकणी परिषद – कुमटा, उत्तर कन्नड जिल्लो कोंकणी परिषत – शिरसी, कोंकणी कला आनी सांस्कृतीक केंद्र – सदाशिवगड, कोंकणी परिषद – बेळगांव ह्या संस्थांचे प्रत्येकी दोन प्रतिनिधी उरता. १९९३ वर्सा हे संस्थेची घटना तयार केले उप्रांत तिची बेंगळुरांत नोंदणी जाली. कर्नाटकांतल्या चडांत चड संस्थांक हे संस्थेच्या आसऱ्याखाला हाडपाखातीर श्री. अरुण उभयकार हाणे विशेश यत्न केलो. अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेकडेन ही संस्था संलग्न आसा. कर्नाटकांत कोंकणी अकादमी स्थापन जावचे खातीर हे संस्थेच्या पदाधिकाऱ्यानी, संबंधीत लोकप्रतिनिधी आनी अधिकाऱ्यांकडेन संपर्क सादून मागणी केली. नाटक कार्यशाळा, कवी संमेलन आनी हेर कोंकणी कार्यावळी ही संस्था आयोजीत करता.

– अरुण उभयकार

अखिल भारतीय कोंकणी परिशद : राष्ट्रीय पांवड्यावयली पयली कोंकणी संस्था. कोंकणी भास, साहित्य, समाज आनी संस्कृताय हांच्या संवर्धनाखातीर भुगोलीक, राजकीय, धार्मीक, जातीय आनी लिपीक विचारसरणिंनी वांटून गेल्ल्या कोंकणी लोकांक एक समान व्यासपीठ उपलब्ध करून दिल्ली आद्य आनी एकमेव लोक संस्था. मुखेलपणान गोंय, कर्नाटक, केरळ आनी महाराष्ट्र अशा चार प्रदेशांनी, हिंदू, किरिस्तांव आनी मुसलमान अशा तीन धर्मांनी, ब्राह्मण, क्षत्रीय, वैश्य आनु शुद्र अशा चार वर्णांनी, नागरी, रोमी, कन्नड आनी मल्ल्याळम अशा चार लिपींनीं वांटून गेल्ल्या कोंकणी समाजाक एकठांय हाडून एकसंघ कोंकणी समाजाची स्वकियांक तशी परकियांक वळख करून दिवपाचें इतिहासीक कार्य केल्ली संस्था.

हे संस्थेची थापणूक ८ जुलय १९३९ वर्सा ऑल इंडिया कोंकणी परिशद ह्या नांवान कारवार हांगा जाली. अशी अखील भारतीय स्वरुपाची कोंकणी संस्था घडची म्हणून कुमठा (कर्नाटक) हांगचे वकील श्री. माधव मंजुनाथ शानभाग हाणों कर्नाटकांतल्या हेर समविचारी कोंकणी लोकांच्या पालवान जुलय १९३९ दिसा कारवारा एका दिसाचें कोंकणी लोकांचें संमेलन घडयलें आनी ह्या संमेलनांत हे संस्थेचो जल्म जालो.

कारवारच्या हिंदू हायस्कुलाच्या सभाघरांत जाल्ल्या ह्या पयल्या संमेलनाचो श्री. माधव मंजुनाथ शानभाग स्वागताध्यक्ष आसलो. श्री. विश्वनाथ पांडुरंग प्रभू अध्यक्ष आसलो. श्रीमती कृष्णाबाय देवराय पणजीकार मुखेल सोयरी आसली. हेर मानेस्तांमदीं, श्री. मुतकेकार, श्रीकृष्ण रावहळदीपूर, पी. एम्. कामत, बी. एस्. मानीनकुर्वे, श्री. सिल्वा आसले. चित्रापूर मठाचे स्वामी आनंदाश्रम स्वामी कारवार तेंकून आशिल्ल्या अंकोला गांवांत आसले, ताणों कारवारा येवन परिशदेक आशिर्वाद दिले. परिशदेच्या ह्या पयल्या अधिवेशनाक कर्नाटक आनी हेर कोंकणी प्रदेशांतल्यान सुमार हजार भर लोक उपस्थीत आसले.

ह्या अधिवेशनांत कोंकणी भास, कोंकणी साहित्य, कोंकणी शिक्षक, कोंकणी संस्कृती आनी कोंकणी समाज ह्या विशयांचेर भासाभास जाली. कोंकणी भास ल्हान आसली तरी तिचें दायज गिरेस्त आसा. तिच्या पुतां-धुवांनी तिका कुस्कुटायल्ल्यान ती वनवास भोगता. उबंत उडयल्ले हे भाशेक लागीं करून तिका वयर काडूया असो विचार थंय जालो. तेचपरी राजकीय, धार्मीक, आर्थीक, सामाजीक लिपीक कारणांखातीर विस्कळीत जाल्ल्या कर्तुत्वी कोंकणी समाजान एकठांय येवन आपली आनी आपले भाशेची उदरगत सादची होय विचार थंय आयलो. तेभायर, दिसपट्ट्या वेव्हारांत कोंकणीचो वापर, कोंकणी पुस्तकां, नियतकालिकांचें प्रकाशन, कोंकणीची आवयभास म्हणून शिरगणतींत नोंद, कोंकणी लोकांच्या भुरग्यांखातीर कोंकणी प्राथमीक शाळा, कोंकणी पाठ्यपुस्तकां हे संबंधीच्यो थंय थारावण्यो जाल्यो. हेर लिपींचो आदर करतानाच कोंकणीखातीर समान लिपी म्हणून देवनागरी लिपीचो वापर क्रमाक्रमान करचो अशी म्हत्त्वपूर्ण थारावणीय

हे परिशदेंत घेतली.

ऑल इंडिया कोंकणी परिशद ह्या नांवान स्थापन जाल्ले हे संस्थेचें १९७४ वर्सा ऑल इंडिया कोंकणी साहित्य परिशद अशें नव्यान नामकरण जालें. ह्याच नांवान तिचें १९७६ वर्सा गोंयांत सोसायटीज रेजिस्ट्रेशन ॲक्टाखाला रजिस्ट्रेशन जावंन तिची मुखेल कचेरी गोंयांत आसची अशें थारलें. उप्रांत तिच्या नांवांतलें साहित्य हे उतर १९९० त गाळून तिका ऑल इडिया कोंकणी परिशद हें नांव दिलें. २००६ वर्सा तिचें पुनर्रजिस्ट्रेशन करताना तिचें अखिल भारतीय कोंकणी परिशद अशें नव्यान नाम करण केले. परिशदेच्या इतिहासांत गरजेनुसार तिका वेगवेगळीं नांवां प्राप्त जालीं आसलीं तरी कोंकणी समाजांत अखिल भारतीय कोंकणी परिशद अशीच तिची वळख आसा.

१९९१ सांवन परिशदेन आपल्या कार्याची व्याप्ती वाडोवन घेतली. दर दोन वर्सांनी जावपी परिशदेच्या अधिवेशनांत कोंकणी भास, साहित्य, संस्कृती, शिक्षण, समाज अशा साबार विशयांचेर विचार मंथन जातालें. दोन वा तीन दीस जावपी ह्या अधिवेशनांत उण्या वेळाक लागून साबार विशयांचेर जावंक जाय तितली चर्चा जावंक पावना जाली. कोंकणी शिक्षण, कोंकणी साहित्य सारक्या विशयांची व्याप्ती आनी योगदान मोठी भर पडिल्ल्यान सगळ्याच विशयांखातीर एकच व्यासपीठ उणें पडूंक लागलें. म्हणून फकत साहित्य ह्या विशयाचें परिशदेचें वेगळे व्यासपीठ आसचें असो एक विचार घोळटालो. साहित्याखातीरच वेगळे अशें 'अखिल भारतीय कोंकणी लेखक संमेलन' नांवाचें व्यासपीठ, गोंयच्या कोंकणी भाशा मंडळावतीन १९७५ सांवन उपलब्ध आसलें. ताचेय पयलीं १९६८ आनी १९६९ वर्सा



संस्थापक
स. माधव मंजुनाथ शानभाग

कोंकणी 'बरोवप्यांचो एकवट' हे गोंयचे संस्थेवरवीं दोन लेखक संमेलनां भरिल्लीं. १९६८ ते १९९० मेरेन धा साहित्यीक संमेलनां जालीं तीं फकत गोंयांतच जालीं. कारण तीं आयोजीत करपी संस्थांचे कार्य मर्यादा गोंयापुरती आसली. गोंयाभायर साहित्य संमेलनां घडोवन तांकां खरेल्या अर्थान अखील भारतीय साहित्य संमेलनांचे स्वरुप दिवप ह्या उद्देशान तांच्या आयोजनाची जापसालकी अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेकडेन सोंपयली आनी परिशदेच्या आयोजनाखाला इकरावें साहित्य संमेलन १९९२ त कारवारा जालें. उप्रांतचीं सगळीं साहित्य संमेलनां (गोंयांत तशीं गोंयाभायर) परिशदेवतीनच जायत आसात.

एक भास, एक लिपी, एक साहित्य, एक समाज ह्या तत्त्वावरवीं संसारभर शिंपडून गेल्ल्या कोंकणी लोकांक, प्रदेश, धर्म, जात, लिपी विरयत एकठांय हाडून, सक्षम असो कोंकणी समाज घडोवन, ते वरवीं ह्या समाजाकडल्यान राष्ट्रीय तशें आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार देखदेणें योगदान घडचें हें उद्दीश्ट नदरेमुखार दवरून परिशद फाटलीं सत्तर वर्सां कार्यरत आसा. सुर्वेचीं, विशेश करून गोंयचे सुटके पयलींचीं, कांय वर्सां सोडलीं तर एक वर्सा परिशद, एक वर्सा साहित्य संमेलन अशीं २७ अधिवेशनां आनी १९ संमेलनां सातत्त्यान घडोवन हाडून परिशदेन कोंकणी चळवळीखातीर राष्ट्रीय व्यासपीठ दिलां. कोंकणीक साहित्य अकादेमीची मान्यताय, भारताच्या संविधानांतल्या आठव्या परिशिष्टांत कोंकणीचो आस्पाव, आकाशवाणी, दूरदर्शनाचेर कोंकणी, राज्यां-राज्यांनी सरकारी कोंकणी अकादेमी, राज्यां-राज्यांनी कोंकणी शिक्षण, राज्यां-राज्यांमदीं साहित्यीक आदान - प्रदान, प्रादेशीक कोंकणी भाशा मंडळांची थापणूक अशे राष्ट्रीय पांवड्यावयल्या उपक्रमांक विचार आनी चालना दिवपी परिशदेन राष्ट्रीय व्यासपीठ उपलब्ध केलें. खासा गोंयचें स्वतंत्र राजकीय अस्तित्व (संघप्रदेश, घटकराज्य) गोंय राज्याची कोंकणी राजभास, प्राथमीक ते पदव्युत्तर शिक्षणामेरेन कोंकणी शिक्षण अशा साबार उपक्रमांचे चळवळीक परिशदेच्या व्यासपिठान मार्गदर्शन केलां. प्रादेशीक, राष्ट्रीय उपक्रमासंबंधीं पयलीं परिशदेच्या व्यासपिठार विचार जावन तो मुखार गेला. प्रत्यक्षांतलो वावर हेर कोंकणी संघटणांनी केला आसलो तरी ते खातीर लागपी प्रेरणा, प्रोत्साहन, मार्गदर्शन, नैतीक बळगें, नेतृत्व तशें अनुयायी परिशदेच्या व्यासपिठान दिल्यात.

फाटलीं सत्तर वर्सां सातत्यान कोंकणी मनशांक एका व्यासपिठार हाडून तांचेमदीं कोंकणीची जागृताय सतत जिवी दवरपाचें इतिहासीक कार्य करपी राष्ट्रीय पांवड्यावयली सक्रीय अशी ही एकमेव संस्था आसा.

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेची आतामेरेनचीं सत्तावीस अधिवेशनां :

स्थापना आनी पयलें अधिवेशन-
कारवार, ८-९ जुलय, १९३९
संस्थापक येवकार अध्यक्ष - श्री. माधव मंजुनाथ शणै शानभाग,
अध्यक्ष - श्री. विश्वनाथ पांडुरंग प्रभू.

दुसरें अधिवेशन-
उड्डपी ३१ डिसेंबर, १९४०,
येवकार अध्यक्ष - डॉ. टी. एम. ए. पै,
अध्यक्ष - श्री. जेरोम साल्ढाना.

तिसरें अधिवेशन-
मुंबय ४-५ एप्रील १९४२,
येवकार अध्यक्ष - श्री. वामन रघुनाथ वर्दे वालावलीकार ऊर्फ शणै गोंयबाब,
अध्यक्ष - प्रो. आर्मांद मिनेझीस.

चवथे अधिवेशन-
मुंबय १९४९,
येवकार अध्यक्ष-रेव्हरंड डॉ. एच. ओ. मास्कारेन्हास,
अध्यक्ष - डॉ. एम. यू. मास्कारेन्हास,
उद्घाटक - स्वामी आनंदाश्रमजी (चित्रापूर मठाचे स्वामी).

पांचवें अधिवेशन–
मुंबय २३–२४ फेब्रुवारी १९५२,
येवकार अध्यक्ष – बा. भ. बोरकार ऊर्फ बाकीबाब बोरकार,
अध्यक्ष – डॉ. मारियान साल्ढाना,
उद्घाटक – व्हालेरियान कार्डिनल ग्रासियस (मुंबयचे आर्चबिशप).

सवें अधिवेशन–
मुंबय २७–२८ एप्रील १९५७,
येवकार ध्यक्ष – श्री. रामचंद्र नारायण नायक,
अध्यक्ष – डॉ. सुमित्रा मंगेश कत्रे,
उद्घाटक – आचार्य काकासायब कालेलकार.

सातवें अधिवेशन–
कारवार १६ मे १९६०,
येवकार अध्यक्ष – ॲड. पी. एस. कामत,
अध्यक्ष – डॉ. बी. एम. सालेतोर,
उद्घाटक – श्री. द्वारकानाथतीर्थ (पर्तगाळ मठाचे स्वामी).

आठवें अधिवेशन–
मडगांव–२६–२७ मे, १९६२,
(मुक्त गोंयांतलें पयलें अधिवेशन),
येवकार अध्यक्ष – श्री. रवींद्र केळेकार,
अध्यक्ष – डॉ. मनोहरराय सरदेसाय,
उद्घटक – श्रीमती व्हायोलेट आल्वा (राज्यसभा उपाध्यक्ष)

णववें अधिवेशन –
मुंबय २०–३० सप्टेंबर, १९६७
येवकार अध्यक्ष : मोंसिन्योर आयरिश फेर्नांदीस
अध्यक्ष : श्री. बा. ब. बोरकार ऊर्फ बाकीबाब बोरकार
उद्घाटक : श्री. वसंतराव नाईक (महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री)

धावें अधिवेशन –
पणजी ९–१० फेब्रुवारी, १९७४
येवकार अध्यक्ष : श्री. अनंत नरसिंह नायक (बाबू नायक)
अध्यक्ष : क्षी. के. के. पै
उद्घाटक : डॉ. सुनितिकुमार चटर्जी (साहित्य अकादेमीचे अध्यक्ष)

इकरावें अधिवेशन –
मंगळूर : २१–२२ फेब्रुवारी १९७६
येवकार अध्यक्ष : श्री. के. के. पै
अध्यक्ष : श्री. चंद्रकांत केणी
उद्घाटक : श्रीरामकृष्ण मिशन मंगळूरचे स्वामी

बारावें अधिवेशन : कोची ११–१२ फेब्रुवारी १९७८
येवकार अध्यक्ष : डॉ. जे. ए. भट
अध्यक्ष : श्री. रवींद्र केळेकार
उद्घाटक : श्री. ए. के. एन्थनी (केरळचे मुख्यमंत्री)

तेरावें अधिवेशन –
मुंबय १२–१३ एप्रील, १९८०
येवकार अध्यक्ष : श्री. ए. जे. मार्तिरीश
अध्यक्ष : श्री. एन. पुरुषोत्तम मल्ल्या
उद्घाटक : श्री. प्रतापसिंग राणे (गोंयचे मुख्यमंत्री)

चवदावें अधिवेशन –
पणजी २७–२८ फेब्रुवारी १९८२
येवकार अध्यक्ष : श्री. उदय भेंब्रे
अध्यक्ष : श्री. व्ही. जे. पी. साल्डाना
उद्घाटक : डॉ. उमाशंकर जोशी (साहित्य अकादेमीचे अध्यक्ष)

पंदरावें अधिवेशन –
बेंगळूर ११–१३ मे १९८४,

येवकार अध्यक्ष – श्री. एम. यू. हट्टीकुडूर,
अध्यक्ष – श्री. नागेश सोंदे,
उद्घाटक – श्री. ए. एन. बानर्जी
(कर्नाटकाचे राज्यपाल).

सोळावें अधिवेशन –
कोची २४–२५ मे, १९८६,
येवकार अध्यक्ष – श्री. एन. पुरुषोत्तम मल्ल्या,
अध्यक्ष – श्री. उदय भेंब्रे, उद्घटक – श्रीमती एम. कमलम (केरळच्यो सहकार मंत्री)

सतरावें अधिवेशन –
मणिपाल ६–८ जानेवारी १९८९,
येवकार अध्यक्ष – श्री. टी. रमेश यू पै,
अध्यक्ष – श्री. माधव विठ्ठल कामत,
उद्घटक – श्री. एदुआर्द फालैर
(केंद्रीय अर्थ खात्याचे राज्यमंत्री)

अठरावें अधिवेशन –
रामनाथी (गोंय) १४–१६ डिसेंबर १९९०,
येवकार अध्यक्ष – श्री. माणिकराव गावणेकार,
अध्यक्ष – प्रो. आर. के. राव,
उद्घटाक – डॉ. जुझे पेरैरा.

एकोणिसावें अधिवेशन –
मडगांव १६–१७ जानेवारी १९९३,
येवकार अध्यक्ष – श्री. दत्तराज साळगांवकर,
अध्यक्ष – श्री. जे. बी. मोरायश,
उद्घटक – श्री. रवी नायक (गोंयचे मुख्यमंत्री).

विसावें अधिवेशन –
शिरसी (कर्नाटक)–११–१२ फेब्रुवारी १९९५,
येवकार अध्यक्ष – श्री. व्ही. एस. सोंदे,
अध्यक्ष – डॉ. काशिनाथ महाले,
उद्घटक – श्री. आर. व्ही. देशपांडे
(कर्नाटक राज्याचे मंत्री).

एकविसावें अधिवेशन –
मुंबय १८–१९ जानेवारी १९९७.
येवकार अध्यक्ष – श्री. एस. एफ. एक्स. पेरैरा,
अध्यक्ष – डॉ. विल्यम माडता.

बाविसावें अधिवेशन –
बेळगांव १५–१७ जानेवारी १९९९,
येवकार अध्यक्ष श्री. हरिश्चंद्र उर्फ चंद्रा पै,
अध्यक्ष – श्री. पुंडलीक नारायण नायक,
उद्घटक – श्री. उमेश कत्ती
(कर्नाटक राज्याचे साकार मंत्री)

तेविसावें अधिवेशन – मंगळूर २०–२१ एप्रील, २००२,
येवकार अध्यक्ष – मोंसिन्योर अलेक्झांडर एफ डिसोजा,
अध्यक्ष – डॉ. तानाजी हळर्णकार,
उद्घटक – श्री. रामनाथ राय (कर्नाटकाचे नुस्तेंमारी मंत्री)

चोविसावें अधिवेशन –
कालिकत (केरळ) १३–१५ फेब्रुवारी, २००४,
येवकार अध्यक्ष – श्री. के. सुरेंद्र राव,
उद्घटक – श्री. ओ. राजागोपाल
(केंद्रीय संसदीय कार्यराज्यमंत्री),
अध्यक्ष – श्री. बस्ती वामन शणै.

पंचविसावें अधिवेशन –
पणजी (गोंय) १०–१२ फेब्रुवारी २००६,
येवकार अध्यक्ष – ॲड. शांताराम नायक,
उद्घटक – श्री. एस. सी. जामीर (गोंय राज्यपाल),
अध्यक्ष – श्री. पावल मोरायस.

सव्वीसावें अधिवेशन –
एरणाकुळमं (कोच्ची) १–३ फेब्रेर २००८,

येवकार अध्यक्ष – टी. एम्. वी. शैणै,
उद्घटक – श्री. के. के. पै,
अध्यक्ष – ॲड. शांताराम नायक

सत्तावीसावें अधिवेशन –
सांघळी (गोंय) ५–६ फेब्रेर २०१०,
येवकार अध्यक्ष – श्री. विश्वजीत राणे
(मा. भलायकी मंत्री, गोंय राज्य),
उद्घाटक – श्री. रवींद्र केळेकार,
अध्यक्ष – डॉ. एच्. शांताराम.

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेची आजमेरेन जाल्लीं अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलनां

पयलें संमेलन –
श्री दामोदर विद्याभुवन मडगांव,
२३ जून, १९६८
येवकार अध्यक्ष – श्री. बाकीबाब बोरकार,
अध्यक्ष – श्री. लक्ष्मणराव सरदेसाय.

दुसरें संमेलन –
क्रिश्त रेय सभाघर, पणजी,
१५,१६ नोव्हेंबर १९६९,
उद्घाटक – श्री. गोपाळ आ. कामत,
येवकार अध्यक्ष – फा. मोरेन द् सौज,
अध्यक्ष – श्री. रवींद्र केळेकार,
कार्यदर्शी – श्री. नागेश करमली.

तिसरें संमेलन –
श्री दामोदर विद्याभुवन मडगांव,
१५, १६ फेब्रुवारी १९७५,
उद्घाटक – श्री. देवराय वैंदुर,
येवकार अध्यक्ष – श्री. एवाग्रियु जॉर्ज,
अध्यक्ष – श्री. उदय भेंब्रे,
कार्याध्यक्ष – प्रो. शांताराम हेदे,
कार्यदर्शी – श्री. पंडुलीक नायक.

चवथें संमेलन –
मोसिन्योर दाल्गादु नगर म्हापशें,
७, ८, मे १९७७,
उद्घाटक – डॉ. नामवर सिंग,
येवकार अध्यक्षक– श्री. पां. पु. शिरोडकार,
अध्यक्ष – फा. आंतोनियु पेरैर,
कार्याध्यक्ष – श्री. सुरेश आमोणकार,
कार्यदर्शी – श्री. शंकर भांडारी.

पांचवें संमेलन –
गोमंत विद्या निकेतन मडगांव,
२, ३, ४ मार्च, १९७९,
उद्घाटक – श्री. भवानीप्रसाद मिश्र,
येवकार अध्यक्ष – श्री. फेलिसियु कार्दोज,
अध्यक्ष – श्री. श्रीपाद रघुनाथ देसाय,
कार्याध्यक्ष – श्री. पांडुरंग पै फोंडेकार,
कार्यदर्शी – श्री. बाबय वेरेंकार, श्री. सोतेर बार्रेत,

सवें संमेलन–
माधव मंजुनाथ शानभाग नगर,
काणकोण १४, १५ फेब्रुवारी, १९८१,
उद्घाटक – श्री. माधव विठ्ठल कामत,
येवकार अध्यक्ष – प्रा. आल्वारू रेनात मेंदीश,
अध्यक्ष – प्रो. शांताराम हेदे,
कार्याध्यक्ष – श्री. रमेश कोमरपंत,
कार्यदर्शी–श्री. अनील पै, श्री. मार्टीन मिनीन फेर्नांदीश.

सातवें संमेलन –
कृष्णदास शामा नगर, कुडचडे,
१९, २० फेब्रुवारी, १९८३,

उद्‌घाटक – श्रीमती मार्गारिट आल्वा,
येवकार अध्यक्ष – श्री. नागेश करमली,
अध्यक्ष – फा. स्वामी सुप्रीय,
कार्याध्यक्ष – श्री. उल्हास बुयांव,
कार्यदर्शी – श्री. विठ्ठल आवदियेंकार,
श्री. आनंद मंगेश नायक.

आठवें संमेलन –
दादा वैद्य नगर, रामनाथीं
११, १२ मे, १९८५
उद्‌घाटक – श्री. रामानंद सागर,
येवकार अध्यक्ष – श्री. एन्. शिवदास,
अध्यक्ष – श्री. दामोदर मावजो,
कार्यदर्शी – श्री. श्रीधर वेरेंकार.

णववें संमेलन –
शणै गोंयबाब नगर, सांखळी
१६, १७ मे १९८७,
उद्‌घाटक – प्रा. एम्. तोंबी सिंग,
येवकार अध्यक्ष – प्रा. अरुण साखरदांडे,
अध्यक्ष चा. फ्रा. द. कोश्त,
कार्याध्यक्ष – श्री. सदानंद काणेकार,
कार्यदर्शी – श्री. सदानंद तेंडुलकार.

धावें संमेलन –
मुरारबा पेडणेकार नगर, पेडणें,
१७, १८ फेब्रुवारी १९९०,
उद्‌घाटक – फा. आंतोनियु पैरैर,
येवकार अध्यक्ष – श्रीमती कमल पासेकार,
अध्यक्ष – श्री. गुरुनाथ केळेकार,
कार्याध्यक्ष – श्री. सुहास पार्सेकार,
कार्यदर्शी – श्री. प्रकाश तळवणेकार.

इकरावें संमेलन –
माधव मंजुनाथ शानभाग नगर, कारवार,
४, ५ फेब्रुवारी, १९९०,
उद्‌घाटक – डॉ. शिवराम कारंत,
येवकार अध्यक्ष – श्रीमती कमल पार्सेकार,
अध्यक्ष – श्री. गुरुनाथ केळेकार,
कार्याध्यक्ष – श्री. सुहास पार्सेकार,
कार्यदर्शी – श्री. प्रकाश तळवणेकरा.

इकरावें समेलन–
माधव मंजुनाथ शानभाग नगर, कारवार,
४, ५ फेब्रुवारी, १९९०,
उद्‌घाटक – डॉ. शिवराम कारंत,
येवकार अध्यक्ष – श्रीमती आशा पालनकार,
अध्यक्ष – श्री. एडवीन जे. एफ. डिसौझा,
कार्याध्यक्ष – श्री. पुरुषात्तम देसाय,
कार्यदर्शी – श्री. दिपक गांवकार.

बारावें संमेलन –
गुंडू सिताराम आमोणकार नगर, म्हापशें,
५, ६ मार्च १९९४
उद्‌घाटक – फा. मोरेन द् सौज,
येवकार अध्यक्ष – श्री. तोमाझीन कार्दोझ,
अध्यक्ष – श्री. वी. वी. बाळिगा,
कार्याध्यक्ष – डॉ. तानाजी हळर्णकार,
कार्यदर्शी – श्री. भरत नायक.

तेरावें संमेलन –
सुभाषचंद्र प्रभू नगर, कोच्ची (केरळ),
२५, २६ ऑगस्ट, १९९६,
उद्‌घाटक – श्री. एम्. टी. वासुदेवन नायर,
येवकार अध्यक्ष – श्री. गोकुळदास प्रभू,
अध्यक्ष – श्री. नागेश करमली,
कार्यादर्शी – श्री. सुरेश ए. शणै.

चौदावें संमेलन –
प्रो. लुर्दीन रॉद्रीगीश नगर, मडगांव,

२३, २४, २५ मार्च १९९८,
उद्घाटक – श्री. भास्कर चंदावरकार,
येवकार अध्यक्ष – श्री. अवधूत तिंबलो,
अध्यक्ष – श्रीमती शीला कोळंबकार,
कार्याध्यक्ष – श्री. राजू नायक,
कार्यदर्शी – श्री. श्रीधर कामत.

पंदरावें संमेलन–
प्रो. जॉकी आंतोन फेर्नांडीस नगर, पर्वरी
२१, २२ एप्रील, २००१,
उद्घाटक – श्री. गुलजार,
येवकार अध्यक्ष – श्री. भरत नायक,
अध्यक्ष श्री. गोकुळदास प्रभू,
कार्याध्यक्ष – श्री. तुकाराम शेट,
कार्यदर्शी – श्री. शशीकांत पुनाजी.

सोळावें संमेलन –
आचार्य धर्मानंद कोसंबी नगर, वास्को,
१०, ११ मे २००३,
उद्घाटक – मेजर जनरल हिंमतसिंग गील,
येवकार अध्यक्ष – श्री. प्रकाश पाडगांवकार,
अध्यक्ष – श्री. पी. जी. कामत,
कार्याध्यक्ष – श्री. गोविंद खरंगटे,
कार्यदर्शी – श्री. पद्मनाभ आमोणकरा.

सतरावें संमेलन –
कुमठा, कर्नाटक,
१९, २० फेब्रुवारी २००५,
उद्घाटक – डॉ. चंद्रशेखर कंवार,
येवकार अध्यक्ष – श्री. मुरलीधर प्रभू,
अध्यक्ष – श्री. महाबळेश्वर सैल,
कार्याध्यक्ष – श्री. नागेश वि. शानभाग.

अठरावें संमेलन –
कुडचडें – गोंय
४, ५, ६ मे २००७,
उद्घाटक – श्री. दिनेश मिश्रा,
येवकार अध्यक्ष – श्री. अशोक कामत,
अध्यक्ष – श्री. जे. बी. सिक्वेरा,
कार्याध्यक्ष – श्री. दिनेश मणेरकार,
कार्यदर्शी – श्री. एकनाथ नायक.

इकणुसावें संमेलन –
कुंदापुर – कर्नाटक,
७, ८ फेब्रुवारी २००९
उद्घाटक – श्री. दयानंद पै,
येवकार अध्यक्ष – डॉ. एच्. शांताराम,
अध्यक्ष – श्री. रमेश वेळुस्कार,
कार्याध्यक्ष – श्री. यू. एस्. शेणै.

– सं. मं.

अग्नी, गोविंदराव : (जल्म २० मे १९१५, लोलयें, काणकोण – गोंय)

पंडित गोविंदराव अग्नी हो एक नामनेचो गोंयकार गायक आनी संगितकार. हाचो जल्म २० मे १९१५, लोलयें, काणकोण गोंय हांगा गौड सारस्वत ब्राह्मण घरण्यांत जालो. किर्तनकार आशिल्ल्या बापायचें गायन आनी अभिनयाचें गुण ताका जलमताच लाबिल्लें. रंगकर्मी रघुवीर सावकार हाचें 'रंगबोधेच्छू नाट्य समाज' हें नाटक संस्थेत १९३० त तो गेलो. थंय ताका नाट्य संगीताचें आनी अभिनयाचें गिन्यान रघुवीर सावकार हाचेकडल्या मेळ्ळें. पंडित निलकंठबुवा चिखलीकर हाचेकडल्यान ताणें गायनाचें फुडलें शिक्षण घेतले. 'संशय कल्लोळ' नाटकांतली साधुची भुमिका ही ताची रंगमंचावयली पयली भुमिका. फुडें ह्याच नाटकांत रेवती आनी आश्विनशेट

ह्योय भुमिका ताणें केल्यो. उपरांत विष्णुपंत बोरकार हाचे 'प्रभात नाटक कंपनी'त ताणें काम केलें. ताचे भितर संगीतकार जावपाची उपाट उमेद आशिल्ल्यान, आनी ती भागोवपा खातीर नाटक हें माध्यम उणें पडटा हाची जाणीव जाल्यान, ताणें नाटक सोडलें आनी एका घराणेंदार गुरुकडल्यान संगिताचे उंचेले शिकप घेवपाच्या उद्देशान तो मुंबय गेलो. थंय ताणें आग्रा घराण्याचो खादीम हुसेन खाँ हाच्या तालमी खाला रियाज सुरू केलो. थंय आसतनाच खाँ साहेब फैयाज हुसेन खाँ आनी उस्ताद खादीम हुसेन खाँ हाचो भाव उस्ताद अन्वर हुसेन खाँ हाचे गोविंदरावाक गायनाचें मार्गदर्शन मेळ्ळें. उपाट मेहनत करून शास्त्रीय संगितांतली लयकारी, ताल, ख्याल पद्दत विस्ताराची शैली हे सगळें आवश्यक गूण आपणावन तो शास्त्रीय संगितालो एक विशाल गायक जालो.

१९३८ त तो आकाशवाणीचो मान्यवर गायक जालो. मुंबयच्या 'धी गोवा हिंदु असोसिएशन', 'मुंबय मराठी साहित्य संघ' ह्या संस्थांच्या कलाविभागांत ताणें संगीत दिग्दर्शक म्हणून नामनां जोडली. रेडिओ, संगीत, समेलनांनीं दिल्ली, बडोदें, नागपूर, मद्रास, अमृतसर हांगा ताचे संगिताचे कार्यक्रम जाले. १९७२ सावन ताची मुंबय विद्यापीठांतल्या संगीत विभागांत अध्यापक म्हणून नेमणूक जाली.

महाराष्ट्र राज्य सरकारान ताका १९८० त रंगमाचेची पाव शतक सेवा केल्ले खातीर मानपत्र दिवन ताचो भोवमान केलो. १९८८ त गायनाचार्य वझेबुवाच्या नांवान दवरिल्ले अखिल भारतीय मराठी नाट्य परिशदेचें ताका इनाम फाव जालें. १९८८ त, गोमंतक मराठी अकादेमीन ताचो भोवमान केलो.

अंजनीबाई लोलयेकार, निर्मला गोगटे, कान्हो पात्रा, रजनी जोशी, बकुल पंडित, प्रसाद सावकार,

अरवींद पिळगांवकर हो पंडित गोविंदरावाचो मुखेल शिश्य वर्ग आसा. काणकोण कलाकार संघ दर वर्सा पंडित गोविंदराव अग्नी हांचे यादस्तीक म्हणून का रकोणा दर वर्सा संगीत संमेलन आयोजीत करतात.

– सं. मं.

अगरसाळ (अग्रशाळा) : देवळाचे भोंवतणी विंगड विंगड धार्मीक / सामाजीक कार्यावळीं खातीर बांदिल्ली पक्की बांदावळ. 'अग्र' म्हणजे मुखावयली मुखेल अशी साळ. देवळाच्या परिसरांत आशिल्ल्या जायत्या बांदावळीं मदली देवळा मुखार आशिल्ली वा व्हडली आनी सगळ्या म्हत्त्वाची बांदावळ जाल्ल्यान तिका अगरसाळ म्हणटात जावंये. देवूळ हें त्या परिसराचें धार्मीक, सांस्कृतीक, सामाजीक, आध्यात्मीक, शिक्षणीक उपक्रमाचें केंद्र आसल्यान, वेगवेगळ्या मळांवयले उपक्रमांचे आयोजन करपाक

सोपें जावंचें म्हण देवळाच्या प्राकारांत, सरभोंवतणी अगर साळो बांदपाची पद्दत आसा. ह्या अगर साळांचो उपेग देवस्थानाचो प्रशासन – कक्ष, सामुग्री–जतन कक्ष, विद्या दान कक्ष भाविकांचो राबितो कक्ष, सेवेकरी– राबितो–कक्ष, जेवणावळ–कक्ष, सभा समारंभ कक्ष म्हणून देवळा संबंधीत आनी परिसरासंबंधीत साबार कार्यांखातीर जाता. आधुनीक काळांत ह्या अगरशाळांनीं भाविकांच्यो राबित्याची आधुनीक, सगळ्या सोयींनी युक्त अशी, वेवस्था तशें लग्न, मुंजी खातीर आधुनीक पद्दतीचें सभा घर (हॉल) उललब्ध करून दिलां. आदल्या काळांतली एक मजली आनी बैठे पद्दतीचें ही बांदावळ आता आधुनीक काळांत भोवमजली जावंन पयलींचीं लांब – लचक सालां (कुडी) वचून थंय आतां आधुनीक पद्दतीची सदनिका (फ्लॅट) पद्दत आयल्या.

– सं. मं.

अगस्तो : एक वखदी वनस्पती. शास्त्रीय नांव सेसबेनिया ग्रेंडिफ्लोरा, कुटूंब फेबसिय, कन्नड अगस्त्य, संस्कृत अगस्ति. अगसे, अगस्त्य, अगस्तो अशा दोन–तीन नांवांनी ह्या रुखाक वळखतात. ल्हान आकाराच्या ह्या रुखाक हळडुवीं, गुलाबी आनी तांबडी फुलां फुलतात. ह्या झाडांक धार्मीक म्हत्व आशिल्ल्यान हो रुख लोक आपल्या घरामुखार लायतात. नागदेवाक ह्या झाडाची आवड म्हणून सुब्रमण्यम् देवळांत ह्या रुखाक थंय धार्मीक म्हत्व आसा. हाचो वखदी उपेग मोण्णें (फिट), कुश्ठरोग, कातीरोग, गालगुटां आनी घायाक जाता.

– सं. मं.

अघनाशिनी न्हंय : पळयात : झुवारी न्हंय

अच्युतानंद स्वामी : गोंयची एक तपस्वी साधू. ताच्या जल्मा वा जल्म गांवांसंबंधी कांय माहिती मेळना

श्री अच्युतानंद स्वामी शके १८३६ च्या फाल्गून म्हयन्यांत (सन् १९१४) एक दिसा दनपारां तीन वरांचेर भक्ती, ज्ञान आनी वैराग्य ही अमौलीक अशी गुणांची तत्वां घेवन, बार्देश तालुकांतलो शिवोली हांगा तीन कि. मी. अंतराचेर आशिल्ल्या कायसूंव गांवांत आयलो. ताची तेजस्वी ज्ञानमूर्ती, खाकेंतले झोळयेंत विभुतीन भरिल्ली एक डबी, गळ्यांत रुद्राक्षांच्यो माळो, लांब – जाड खाड, मस्तकाचेर जटाभार, आंगार भस्माचे पट्टे, बोटांत एक सुवर्णमुद्रिका, बाहूदंडाक ताईत आनी कंबराक बांदिल्ल्या दोरयेक हुंबकळपी चावी असो ताचो भेस आशिल्लो. अशेतरेच्या भेसाक पळोवन लोकांक नवलूच दिसतालें. ताचें आगमन जाल्या उपरातं थंय जमिल्ल्या लोकांनीं ताची वासपूस करपाक सुरवात केली.पूण कोणाकूच ताच्या पूर्व इतिहासाचो पत्तो लागलो ना. उपरांत तो कायसुंवच्या किल्ल्यामेरेन गेलो आनी थंयच्यान परत फाटीं परतलो. एका पसरकाराकडल्यान पणसाच्यो शिरो विकत्यो घेवन तातुंतले गरे खाले आनी सांजमेरेन गांवांत भोंवडी केली.

तो सदांच दर्यांत उडी मारून न्हांवन, आंगाक, कपलाक भस्म लावन आसनस्थ बसतालो. स्वामी जेन्ना तपश्चर्येखातीर बसतालो तेन्ना भक्तींत गूल्ल जातालो. तपश्चर्या करतासतना तोंडांत मंत्र उच्चारीत खर वतांत बसून तो आपल्या साधनेक सुरवात

करतालो. ताची ही खर तपश्चर्या पळोवन ती सादी व्यक्ती नासून तो एक महापुरुसच कायसूव गांवांत आयला, अशें गांवच्या लोकांचें मत जालें. अच्युतानंद स्वाम्यान आपल्या सांप्रदायाचो केन्नाच उल्लेख केलो ना अशेंय लोक म्हणटाले. पूण ताचो भेस आचार आनी विचार लक्षांत घेतल्यार स्वामी हो नाथ संप्रदायांतलो सिद्धपुरुष आसतलो अशें दिसतालें स्वामिच्या तोंडांतल्यान 'हरहर महादेव' होच मंत्रोद्‌गार सतत आयकूंक येतालो. हाचेवयल्यान स्वामीक खंयच्यातरी नाथपंथी सत्पुरुषाचोच अनुग्रह जाला आसतलो अशें दिसून येतालें.

स्वाम्याचें मूळ नांव अच्यूत. फुडें ताणें आनंद हें नांव जोडून ताचें 'अच्युतानंद' हें नांव पडलें आसूं येता. अच्यूत म्हळ्यार केन्नाय च्यूत (पदभ्रष्ट न जावपी) असो अध्यानंद ताणें मेळयिल्लो म्हणूनच अच्युतानंद हें नांव तांकां सोबतालें. वृत्ती आनी भक्ती हाका लागून ताच्या दर्शनाक भाविकांची उपाट गर्दी जावपाक लागली. पणजेंतलो सुप्रसिद्ध वेपारी राया कामत घाणेकार घराब्यान स्वामीक रावपाखातीर एक मठ बांदून दिलो. महाराज केन्नाय मठांत तर केन्नाय खोपींत येवन बसतालो. एक दीस स्वामीन स्वता खोपीक उजो पेटयलो आनी मोठ - मोठ्या न हासूंक लागलो. खोपीक लागिल्या उज्यापासून स्वामी बरोच लागीं आशिल्लो पूण स्वामीक मात लेगीत उज्याची कीट वा धग लागलो ना असो तेन्ना चमत्कार घडलो. स्वाम्याची वृत्ती अलौकीक आसली. एके लंगोटी शिवाय तो आंगार कसलेच तरेचे वस्त्र दवरी नासलो. एखाद्या भाविकान दिल्ले वस्त्र तो दुसऱ्याक दान करतालो. भावीक ताचे दर्शन घेवपाक येताना नाल्ल, सखर, केळीं आदी हाडिल्लीं फळावळ तो परत भाविकांक प्रसाद म्हणून दितालो.

गोंयांत जेन्ना इन्फ्लुएंझा जोराची साथ पसरिल्ली तेन्ना ह्या साथिच्या जोराक लागून लोक एका फाटोफाट मरपाक लागिल्ले. लोकांच्या मनांत भिरांतेचे वातावरण पसरिल्लें. ज्या गांवांत स्वामी आशिल्लो त्या कायसूंव गांवांत एकाच दिसांत कितलेशेच लोकांक मरण आयलें. लोक स्वामीक शरण गेलो. स्वामी समाधीस्त आशिल्लो आनी जेन्ना स्वामी समाधिंतल्यान भायर सरलो तेन्ना भाविकांनी साथिच्या जोरापसून लोकांक आयिल्ले मरणाविशीं खबर सांगली. ही खबर आयकून स्वामीक दया आयली आनी 'हरहर महादेव' अशी घोशणां करीत तुमकां भिवपाची कसलीच गरज ना अशें सांगून तांकां धीर दिलो. आनी स्वामी स्वता घराघरांनी वचून घरांतल्या दर एका सदस्याक विभुती लायली. तेन्नासावन गांवांत आयिल्लीं संकटां पयसावली. तशेंच कितलेशाच लोकांक बऱ्याच व्याधिपासून बरे केल्ल्याची आख्यायिका जाण्टेल्यांच्या तोंडांतल्यान आयकूंक मेळटाली.

एक दीस स्वामी समाधी लावन ईश्वरीय आनंद सूख अणभवतालो. अशा वेळार कायसूंव गांवांतलो सिद्धेश्वर देवाचो अवसर येवपी चंद्रो भिवा दाभोलकर स्वामिकडेन आयिल्लेकडेन ताच्या आंगांत श्री सिद्धेश्वर देवाचो अवसर आयलो. अवसर येताच कापराचे एक बंडल घेवन तो सवामी मुखार उबो रावलो आनी तातुंतलो एक कापूर पेटोवन आंगार दवरून म्हळें, 'ह्या स्वामिची समाधी कायसुंवांतूच जातली आनी तो काळ आतां लागीं पावला' इतलें उलोवन जाल्या उपरांत अवसर देवलो

लोकांक अर्थप्राप्ती, संतान प्राप्ती, व्यसन मुक्ती अशी लोकसेवा कार्यां स्वामीन आपल्याक प्राप्त जाल्ले सिद्धिवरवी सार्थ केली. स्वामिच्या दर्शनान बरेंच जाण बऱ्या मार्गाक लागले. स्वामिची इहलोकाची यात्रा

सोपली. दोन – तीन दीस स्वामी हांतरुणार आशिल्लो. ही खबर भाविकांक कळनाफुडें भाविकांनी व्हडा संख्येन स्वामिचे दर्शन घेवपाखातीर रांग लायली. श्री सिद्धेश्वर देवाच्या शब्दाप्रमाण श्री सिद्धेश्वर मठांत फाल्गून कृष्ण अष्टमी ता. १३ मार्च १९३८ रातचें ९ वरांचेर स्वामिची दिपज्योत पालवली.

नवमिच्या राती कायसूंव हांगा सिद्धेश्वर मठांत कायसूंव आनी म्हापशां हांगाचे भक्त मंडळी, ग्रामस्थ हाणें एकठांय येवन मठामुखार समाधी बांदपाचे थारलें. 'श्री अच्युतानंद महाराज की जय' ह्या भक्तांच्या घोशणांनी कायसूंव गांव भरून गेलो. समाधींत भावीक भक्तांनी, ग्रामस्थांनी गोड, मीठ आनी कापूर आदी वासाचे पदार्थ उडोवन समाधी बंद केली. अशेतरेन श्री अच्युतानंद स्वामी कायसुंवच्या तपोभूमीत स्थीर जालो. स्वामी अच्युतानंद देवस्थानांत ज़य पवीत्र स्थळांत स्वामिची समाधी बांदल्या थंय भावीक एक वेळ तरी आपली भेट दिवन वतातूच. स्वाम्याचे पवीत्र यादीचें स्मरण जावंचें म्हणून कायसूंव गांवांत गांवकार आनी भावीक वर्सावळिचे उत्सव करतात.

– सं. मं.

अडुकसो : पळयात : अडुळसो

अडुळसो (अडुकसो) : मराठी – अडुळसा, हिंदी – अडोसा, गुजराथी–अरडुसो, कन्नड – आडुसोगो, संस्कृत – वासक, मल्ल्याळी – अटोलोटकम, तमीळ – अडतोडै, तेलुगु – अडुरसम, पंजाबी – भेक्कर, इंग्लीश – मलबार नट, लॅटीन –

Adathoda Vasika, कूळ – Acantaceae.

ही ल्हान झाड– झोंपांनी जावपी वखदी वनस्पत. उंचाय सुमरा १.२ ते २.४ मी. पानां सादीं, मध्यम आकाराचीं, लांबशीं, वयर गडद पाचवीं आनी पोंदच्यान लेव पाचवीं. ऑगस्ट ते नोव्हेंबर म्हयन्यांत ताळयेचे तेंगशेर (फुलांचे) तुरे येतात. अडुळशांत गाड पिंगशा रंगाचो एक प्रकार आसता. ताका काळो अडुळसो म्हणटा. हो सोबेखातीर बागांनीं लायतात आनी ताका ल्हान लेव रंगाची फुलां येतात. खांदयेच्या तेंगशेक धवीं फुलां येतात. ह्या फुलांचो रंग धवो आसता. ताका लांबशें आनी तोंक आशिल्लें फळ येता.

गोंय, कोंकण आनी दख्खनच्या पठराचेर शेताच्या कडांनी वा पोरसांच्या वंयेंक हें झोंप लायिल्लें दिश्टी पडटा. हाची पानां साऱ्या खातीर उपेगी पडटात. तातूंत वासिसाईन हें अल्कलॉइड आनी ॲधॅटोडिक

अम्ल आसता.

थंडी भरून येवप, खांक येवप, उस्वास घेवपाक त्रास जावप, रक्तपित्त ह्या दुयेंसांचेर म्होंव, सूठ, मिरी आनी पिंपळी (एक वखदी झाड) घालून अडुळशाचो रोस दितात. अडुळशाचीं पानां उकडिल्ल्या उदकान जोराच्या वायटकाराक न्हाणयतात. पानांचो रोस पातळ परसाकडे आनी खडी जावप (परसाकडे सुकून येवप) हाचेर उपायकारक थारता. ह्या झाडाच्या कांडाचो कोळसो बंदुकिची दारू करपाक वापरतात. झाडाचीं मुळां तांदळांत (तांदूळ धुल्लें उदक) उकडून बायलांक जावपी मासिक पाळीविशींच्या (आंगार धवें जावप) विकाराचेर दितात. फुलां नाजूक आनी अल्पजिवी जाल्ल्यान तीं रोखडींच बावता आशिल्ल्यान तांचो केसांत माळपाक क्वचीतच वापर जाता.

– सं. मं.

अडेजकी (पाढो) : आदल्या काळांत शाळेंत गणिताच्या अभ्यासक्रमांत पाढे शिकयताले आनी विद्यार्थ्यांकडसून ते पाठ करून घेताले. पाढे म्हणजे गणिती कोश्टकां. तीं लिखीत तशीं मौखीक पद्दतीचीं आसतालीं. अशा कोश्टकांनी जलद, तात्काळ आनी खात्रेचो असो आंकड्यांचो हिशोब करपाक भोवच मदत जाताली. जो हिशोब बेरीज, गुणाकार आनी भागाकार पद्दतीन कागदार वा पाटयेर करपाक आंकडेमोड करची लागताली आनी ती करताना जो वेळ लागतालो तो अशा पाढ्यांक लागून लागनासलो. पाढ्यांतल्यान पयल्याच धपक्याक, आनी तोंडांतल्या उतरांतल्यान हिशोब जातालो.

पाढ्यांचे मुखेलपणान दोन गट आसले. एक गट पूर्ण आंकड्यांचो. देखीक – बे (२) ते तीस (३०) पाढ्यांचो. दुसरो, अपूर्ण आंकड्यांचो. देखीक – १) पावकी (१/४), २) निमकी (१/२), ३) पाऊणकी (३/४), ४) सवायकी (१ १/४), ५) दिडकी (१ १/२) ६) अडेचकी (२ १/२) आनी औटकी (३ १/२)

अडीचकी

२॥	२७॥	५२॥	७७॥	१०२॥	१२७॥	१५२॥	१७७॥	२०२॥	२२७॥
५	३०	५५	८०	१०५	१३०	१५५	१८०	२०५	२३०
७॥	३२॥	५७॥	८२॥	१०७॥	१३२॥	१५७॥	१८२॥	२०७॥	२३२॥
१०	३५	६०	८५	११०	१३५	१६०	१८५	२१०	२३५
१२॥	३७॥	६२॥	८७॥	११२॥	१३७॥	१६२॥	१८७॥	२१२॥	२३७॥
१५	४०	६५	९०	११५	१४०	१६५	१९०	२१५	२४०
१७॥	४२॥	६७॥	९२॥	११७॥	१४२॥	१६७॥	१९२॥	२१७॥	२४२॥
२०	४५	७०	९५	१२०	१४५	१७०	१९५	२२०	२४५
२२॥	४७॥	७२॥	९७॥	१२२॥	१४७॥	१७२॥	१९७॥	२२२॥	२४७॥
२५	५०	७५	१००	१२५	१५०	१७५	२००	२२५	२५०

अडेजकी पाढ्याच्या गटाखाला अडेज म्हटल्यार २ १/२ हो मुदल आंकडो येता. ह्या आंकड्या सावन सुरू करून, ह्या आंकड्याच्या एक ते धा पटीन जावपी संखेचो गुणाकार धा वांट्यांनी दाखोवपाची ही सोपी रीत.

अडेजकीचो विस्तार क्रम असो :

एक अडचे अडेज (१x२ $\frac{१}{२}$ = २ $\frac{१}{२}$) बे अडचे पांच (२x२ $\frac{१}{२}$ = ५), तीन अडचे साडेसात (३x२ $\frac{१}{२}$ = ७ $\frac{१}{२}$), चार अडचे धा (४x२ $\frac{१}{२}$ = १०), पांचअडचे साडेबारा (५x२ $\frac{१}{२}$ = १२ $\frac{१}{२}$), स अडजे पंदरा (६x२ $\frac{१}{२}$ = १५), सात अडजे साडेसतरा (७x२ $\frac{१}{२}$ = १७ $\frac{१}{२}$), आठ अडचे वीस (८x२ $\frac{१}{२}$ = २०), णव अडजे साडेबावीस (९ x २ $\frac{१}{२}$ = २२ $\frac{१}{२}$), धा अडजे पंचवीस (१०x२ $\frac{१}{२}$ = २५) .

घोकून घोकून अशी आयती तोंडपाठ गुणाकारी जिबेर उपलब्ध जाल्ल्यान अडेजकेंत योवपी खंयचोय हिशोब तोंडांतल्या तोंडांत आनी खात्रेचो तसो उण्या वेळांत जातालो. अशे पाढे म्हणजे आदल्या काळांतलें संगणकीय सूत्र आसलें अशें म्हणूं येता.

आयच्या अभ्यासक्रमांत, मानसीक आनी बौद्धीक गणिती व्यायाम दिवपी अशे पाढे शिकयनात. आतांतर कॅलक्युलेटर आनी संगणकीय उपकरणा उपलब्ध आशिल्ल्यान तांची गरजय उरूंक ना.

पुरक नोंद : १) पाढे २) पावकी, ३) निमकी, ४) पाऊणकी, ५) सवायकी, ६) दिडकी, ७) औंटकी.

– **सं. मं.**

अत्तरदाणी : अत्तर शिंपडपाखातीर वापरता ती सुरयी आकाराची धातुची वस्त. सकयले वटेन बसका, बसके वयर वाटकुळें आयदन आनी आयदनाच्या वयलेवटेनच्या भागाक पांच – स इंच लांबयेची नळी. हे नळयेच्या वयल्या तोंकाक बारीकशे चार पांच बुराक आसता. नळी आनी वाटकुळें आयदन हांचें जोडप गांवट्याचें आसल्यान तांचे गांवटे सोडोवन उक्तें जाल्ल्या आयदनाच्या तोंडांतल्यान आयदनांत अत्तर भरतात. कांय अत्तरदाणयांनी अत्तर भरपाची वेवस्था नळयेच्या वयल्या तोंकाकडच्या भागाकडेन धांपणे दवरून केल्ली आसता. आयदनाचो भाग मुठींत धरून अत्तरदाणी वावुडली म्हणटकीर, नळयेच्या तोंडाकडच्या बारीक बुराखांतल्यान अत्तराचे बारीक थेंब सभोंवतणीच्या मनशांचेर शिवरतात.

लग्नकार्य सारकिल्या धार्मीक कार्यांनी वा हेर तरेच्या सामाजीक – सांस्कृतीक मजलसिंनीं

आयिल्ल्या सोयऱ्यांक, अत्तराच्या वासान येवकार दिवपाची चाल आसा. अशें करून कार्याविळिचे सुवातेर वासाळ वातावरणनिर्मिती करपाचो ताचो फाटलो उद्देश आसता. आधुनीक काळांत विजेर चलपी यंत्रणेमार्फत अशी अत्तर शिंवरणी यांत्रीक पद्दतीन करप जाता. ख्रिश्चन धर्मगुरु, आपल्या अनुयायींचेर पवित्र उदकाचो (तीर्थ) शिंवर करताना अशेच अत्तरदाणीसारक्या आदनाचो वापर करता.

– **सं. मं.**

अत्रक : पळयात : सुतक

अधीक म्हयनो (चडीत म्हयनो) : निसर्गाचे जिणेंत 'काल' हो एक मुखेल घटक आसा. तो निसर्गाचे जिणेच्यो सगळ्यो गजाली आपल्यांत आस्पावन घेता. हाची लांबाय, रुंदाय, जाडाय, उंचाय मनशाच्यान मेजूंक जायना. म्हूण तर्कशास्त्रांत

कालाक 'अपार, अनंत' अशीं विशेशणां दिल्यात. पूण मनशान आपले तीख बुद्दीन ताचेर मात करून ताचे विभाग केले आनी ताका समजावन घेवपाचो येत्न केलो.

कालाचे मुखेल स भाग आसात (१) वर्स, (२) अयन, (३) रुतू, (४) म्हयनो, (५) पक्ष आनी (६) दीस.

वर्सांच्या तरांक लागून अधीक म्हयनो येता. हातूंत वर्सां पांच तरांची (१) चांद्र वर्स, (२) सौर वर्स, (३) सावन वर्स, (४) नाक्षत्र वर्स आनी (५) बार्हस्पत्य वर्स. हातुंतली चांद्र आनी सौर ही वर्सां अधीक म्हयन्याक कारण आसात.

चांद्र वर्स – हें वर्स तिथींवेल्यान जाता. शुद्ध पाडव्यासून अमासेमेरेन जे दीस जातात ताका चांद्र म्हयनो म्हणटात. हाचे एकुणतीस वा तीस दीस जातात. अशें बारा म्हयने जातकीर एक चांद्र वर्स जाता. हाचे ३५४ दीस जातात. चांद्र वर्स चैत्र म्हयन्यासावन सुरू जाता. ह्या म्हयन्यांक 'चैत्र, वैशाख' बी नांवां आसात.

सौर वर्स – सूर्य सादारणपणान मेश, वृशभ बी राशी तीस दिसांत भोगता. पूण कांय राशी भोगताना ताका एकतीस दीस लागतात. अशो बाराय राशी भोगतकीर सूर्याचें एक वर्स जाता. ताचे ३६५ दीस जातात. हे दीस इंग्रजी वर्सासारके आसात. सौर वर्स मेष राशीसून सुरू जाता. ह्या म्हयन्यांची नांवां 'मेश, वृशभ' राशीं प्रमाणेंच आसात.

वैदिक धर्मांत श्रौत – स्मार्त कर्माच्या नित्य, नैमित्तीक आनी काम्य अनुष्ठानांत चांद्र वर्साचोच उपेग करपाक सांगलां. कारण चंद्राच्या गतीचो संबंद तिथी, नखेत्रां, क्षय, वृद्धी, भरती, सुकती बी गजालीकडेन सदांच उरता. तशेंच चंद्र सव्वा दोन नखेत्रां भोगतकीर एका राशींतसून दुसरे राशींत वता. आनी अनुष्ठानां करताना ह्या सगळ्या गजालींचो विचार करचो पडटा.

सूर्य एक एक म्हयनो एकाच राशींत आसता. तो एका म्हयनांत सादारण सव्वादोन नखेत्रां भोगता. म्हूण चंद्राबद्दलच्यो गजाली हाचे बाबतीत येनात. हाचे एका राशींतल्यान दुसऱ्या राशींत वचप म्हळ्यार हाका 'संक्रांत' म्हणटात. देखीक : मेश संक्रात, कर्क संक्रात, मकर संक्रांत बी. ह्या बाराय संक्रातींक कांय विशेश थारावीक अनुष्ठानां कामां सांगल्यात, ती करपाची आसतात. कर्क संक्रात आनी मकर संक्रात ह्यो दोन मोट्यो संक्रांती, हांकां मोटो पर्वकाल मानला. आनी मकर संक्रात ह्यो दोन मोट्यो संक्रांती. हांका मटो पर्वकाल मानला. सगळ्या संक्रांतींत 'दान बी दिवप पुण्याचें मानलां.' हे शिवाय पंचांगांतलें प्रमुख आंग जे वार ते सूर्याचे उदयाचेर अवलंबून आसात. म्हूण धार्मीक विधानांत चांद्र वर्स आनी सौर्य वर्स हांका खूब म्हत्व आसा. ह्या दोनूय तरांच्या वर्सांक लागून अधीक म्हयनो मानचो पडलो.

चांद्र वर्साचे ३५४ दीस जाल्यार सौर्य वर्साचे ३६५ दीस. दोनूय वर्सांत ११ दिसांचो फरक पडटा. हो फरक ना करपाक अधीक म्हयनो मानलो. चंद्राच्या चैत्र, वैशाख बी म्हयन्यांत जेन्ना सूर्याची संक्रांत येना त्या म्हयन्याक 'अधीक म्हयनो' मानलो. आनी तो म्हयनो सोंपतकीर परतो तोच म्हयनो 'शुद्ध म्हयनो' मानलो. देखीक : खंयच्याय एका वर्सांत चैत्र म्हयन्याच्या ३० दिसांत सूर्याची संक्रांत आयली ना जाल्यार त्या वर्साक तो (चैत्र) म्हयनो 'अधीक म्हयनो' जातलो. हाचो कर्मांगांत 'अधिक चैत्र मासे' असो उल्लेख जातलो. अधिक म्हयनाची उमास सोंपतकीर पाडव्यापासून जो म्हयनो सुरू जातलो तो 'शुद्ध म्हयनो' जातलो. हाचो

कर्मांगांत 'निज चैत्र मासे' असो उल्लेख जातलो. ह्या शुद्ध म्हयन्याची उमास सोंपतकीर जो पाडवो येतलो तो वैशाख म्हयन्याचो पयलो दीस जातलो.

एक अधीक म्हयनो येतकीर सादारणपणान तीस म्हयने जाले उपरांत आट ते णव म्हयने भितर दुसरो अधीक म्हयनो येता. आनी इतले भितर चांद्र वर्साचे आनी सौर वर्साचे दीस सारखे जावन दोनूय वर्सां समान जातात.

अधीक म्हयनो येता तेन्ना चांद्र वर्स तेरा म्हयन्याचें आसता. गोंयांत हाका 'चडीत म्हयनो' अशेंय म्हणटात. उत्पन्ना परस खर्चाचें प्रमाण वाडलें तर 'दुश्काळांत तेरावो (चडीत) म्हयनो' अशी ओंपार आसा.

– डॉ. अनंत राम भट

अधेली : आदलें वापरांत आशिल्लें आठ आण्यांचें नाणें. आदल्या काळांत पै पयसो (तीन पयो) ढब्बू (दोन पयशे), आणो (चार पयशे), दोन आणे (आठ पयशे), चवली /पावली (चार आणे) अधेली (आठ आणे) रुपया (सोळा आणे) अशीं वेगवेगळ्या धातुंची आनी आकाराची नाणीं वापरांत आसली. पै, पयसो, ढब्बू, चवली, अधेली, रुपया हीं वाटकुळ्या आकाराचीं तर आणो हो वेटाळ्यांचो वाटकुळो, दोन आणे हो चवकोनी आसलो. ते भायर बुराकाचो पयसोय वापरांत आसलो. पै, पयसो, ढब्बू हीं तांब्या धातुंची, आणो, दोन आणे, चवली, अधेली तांबेमिस्रित चांदीची, तर रुपया हो चांदीचो आसलो. नाण्याची बाजारी किंमत ही नाण्याखातीर वापरलेल्या धातुचे बाजारी किंमती परस चड आसची हो नाणे निर्मिती फाटल्यान सिद्धांत आसल्याकारणान नाण्याचे किंमतीप्रमाण धातुचो प्रकार तशें प्रमाण वापरप जातालें. नाण्याचे बाजारी किंमती परस, ताच्या धातुंची किंमत चड आसत तर ती चड किंमत घेवंचे खातीर, नाणीं वितळून, नाण्यांची टंचाय निर्माण जावपाची शक्यताय आशिल्ल्यान धातुचो, प्रकार तशें प्रमाण वापरप जाता.

हीं नाणीं ब्रिटीश राजवटीन वापरांत हाडिल्लीं. आनी तीं भारतभर चलताली. पुर्तुगिजांची वसाहत आशिल्ल्या गोंय, दमण, दीव प्रदेशांतय हीं वापरांत आशिल्लीं.

मध्यंतरी पुर्तुगीज प्रशासनांत पुर्तुगालांत वापरांत आशिल्लीं 'रुपीय,' 'तांग' आनी 'रेय' हीं नाणीं १९१० त पुर्तुगीज वसाहतींत चालू केलीं आनी तीं थंय १९५४ मेरेन चल्लीं. उप्रांत १९५५ त पर्थून 'इस्कूद', 'सेंतांव' हीं पुर्तुगाली नाणीं हांगां सुरू केलीं. तीं गोंय स्वतंत्र जायमेरेन म्हणजे १९६१ मेरेन चल्लीं. गोय स्वतंत्र जावन भारतांत विलीन जातकर भारतभर चालू आशिल्लीं शंभर पयशांचो रुपया जावपी पांच पयशे, धा पयशे, पंचवीस पयशे, पन्नास पयशे, रुपया, दोन रुपया, पांच रुपया, धा रुपया अशीं नाणीं वापरांत आयलीं. सद्याक पांच आनी धा पयशांक खरेदी करपाचें मोल ना उरिल्ल्यान, तीं नाणीं वेव्हारांतल्यान गेल्यात. पंचवीस पयशाचें नाणेंय वेव्हारांतल्यान भायर पडपाचे वाटेर पावलां.

– सं. मं.

अनंत – १ (तगर) एकोडी, दोट्टी : (मराठी – अनंत, गोंडे तगर, हिंदी – चांदणी, तगर, इंग्लीश – ईश्टर इंडियन रोजबे, बॅक्स फ्लॉवर, कन्नड – कोट्टुहाले, मघरस गिडा, नंदिबाट्लु,

गुजराती – तगर, तमिळ – अडुक्कुनंदियावत्ताई, कुरुडुजालाई, नंदियावट्टम, तुळू – कोकके कायिद, तेलगु – गंधीतगरपु, नंदियावट्टम, नंदिवर्धनामु, बंगाली – तगर, मल्याळम् – कुट्टामपाले, ताकारम, नंटियावट्टम्, लॅटिन – एर्वाटामिया कोरोनेरिया स्टापक, एर्वाटामिया दिवारिकाटा (लिंन) अल्टोन सिव, टॅबर्नीसमाँटाना, कोरोजेरिया आर. आर. टॅबर्नीमाँटाना डायव्हेरिकाटा, आर. बी. आर. संस्कृत – अश्वधाभेदा, तगर, तारावट, नंघावर्त, नंदी नंदीवृक्ष).

अपोसायनेसी कुळांतले ह्या अनंताच्या झाडाची उंची १ ते २.५ मीटर आसून ताची साल धवश्या रंगाची आसता. ताका एकासामकार एक अशी खूब पानां आशिल्ल्यान पळोवंक आकर्शक दिसतात. तशेंच पानां लांब पूण गोल आसून गुळगुळीत आनी चकचकीत पाचव्या रंगाची आसता. एकोडी अनंताक पांच अलग पाकळ्यांची आनी दोट्टी अनंताक खूब गच्च पाकळ्यांची धवीं फुलां येता. एकोडी फुलांच्यो पाकळ्यो तोंकदार आसून दावेवटेन बावगल्ल्यो आशिल्ल्यान फुलांक गिरगिऱ्याचो आकार येता. एकोडी अनंताक वर्सभर आनीक कुचकुचीत फुलां येता तर दोट्टी अनंताक अदीं मदीं फुलां येता. दोट्टी अनंताची फुलां एकोड्या अनंताच्या फुलांपरस मोठी आसता आनी तीं चड वासाळ आसता.

अनंताच्या झाडाचे लाकूड परमळपी द्रव्य तयार करपाक उपेग करतात. मुळां तिखट आनी कोडू आसून थळावे वेदनाशामक म्हण मुळांचो उपेग करतात. दाढ दुखली जाल्यार हे मूळ दातासकयल चिड्डून दवरतात. घाय जाले जाल्यार त्या घायार जंतून वचपाखातीर मुळांचो पातळ लेप लायतात. बुबुळांतल्या अपारदर्शकता पयसपाखातीर मुळांचो लेप चुन्याच्या निवळीत घोळोवन लायतात. मुळीचो कोळसो पानांतल्या चिकांत घोळोवन नेत्रशोयाचेर लायतात. दोळे आयले जाल्यार तगरीच्या (अनंताच्या) फुलाच्या रसांत तेल घोळोवन दोळ्यांक लायल्यार दोळ्यांचो हुलोप कमी जाता. चर्मरोगाचेर हें मिश्रण उपेगी पडटा. पानांतलो चीक खरजीचो लायल्यार थंय भगभग पडना आनी मागीर थंय सूज येवंक पावना.

तशेंच मुळांक लागून मज्जासंथेक चेतना मेळटा. मुळां उकडून ताचो लेप बाळंतपणांतल्या विखारी जोर खातीर लायतात. ह्या तापाक 'नंज' वा 'नंदवायू' म्हणटात. बाळंतपणाक तकली उसळल्यार ताची मुळां गरम उदकांत उकडून ताचो लेप कपलार लायतात. नेत्रशोयाचेर थंड उरपाखातीर फुलां चिड्डोवन दोळ्यार बांदतात आनी चीक तेलांत घोळोवन ताळयेर चोळटात. सगळे तरेचे वखदी उपाय करचे पयली संबंधीत जाणकारांचो सल्लो घेवप गरजेचें आसा.

– सं. मं.

अनंत – २ (चटकचांदणी) : (मराठी – अनंत, गंधराज, हिंदी, संस्कृत, बंगाली आनी गुजराती – गंधराज, इंग्लीश – केप जॅस्मिन, लॅटीन – गार्डेनिया फ्लोरिडा, कूळ – रुबिएसी)

रुबिएसी कुळांतलें हें वासाळ फुलांचें झाड, मूळचें चीन आनी जपानांतले आसून भारतांत पोरसांत ताची लागवड बरी जाता. ज्या वाठारांत भरपूर पावस पडटा अशा वाठारांत आनी पोरसांत ताची लागवड करतात. ताची उंचाय २ मीटर. साल काळी आनी खरखरीत. पानां एकामेकासामकार, सार्दी, लांबशीं,

गाड पाचवीं, चकचकीत, दाट आनी मोटव्या देठांची, धवीं फुलां वासाची आनी दोट्टी पाकळ्यांचीं फुलां पावसाळ्यांत (जुलय – सप्टेंबर) येतात. फुलां बावतकीर तांचो रंग हळडुवोसार जाता.

ह्या झाडाक फळ केन्नाय लागता. ताका लागून नवे लागवडीखातीर निरोगी झाडाचें एक कलम रेंवट जमनींत शियांच्या दिसानी लायतात. कोंब येतकच कुंडेत तीन वांटे माती आनी एक वांटो कुशिल्ले शेण घालून मे–जून म्हयन्यांत तातूंत सरभोंवतणी बरी माती घालतात. कुंडेंत फाव ती वाड जातकच जायते सुवातेर लावन सारें आनी उदक घालतात. झाडांची वाड जावंक लागतकच घट्ट अशो पांच – स फुलां येवपी ताळयो वाडूंक दवरतात. कळयो येतकच सारें घाल्यार फुलां मोटीं जातात. जशीं – जशीं वर्सां वतात तशीं – तशीं अनंताच्या झाडाचीं फुलां दिवपाची पैदास कमी जायत वता. फुलांच्या आकाराप्रमाण आनी पाकळ्यांप्रमाण अनंताच्यो कितल्योश्योच जाती आसात.

चिनी लोक चायेक बरो वास येवपाखातीर अनंताची फुलां घालतात. तशेंच अनंताच्या फळांपसून चीनी लोक कपडे रंगोवपाखातीर हळडुवे आनी जांबळो रंग तयार करतात. फळांत पेकिटन, क्लोसेजेनिन टॅनिन आनी तांबडे अस्फटिकी द्रव्य आसता. केसरांपसून काडिल्ल्या क्रोझिनचेर तांचे साम्य आसता.

अनंत एक वखदी झाड. तकली उसळल्यार ताच्या मुळांचो लेप लायतात. त्याचप्रमाण सूज आयल्या थंय लायतात.

तशेंच मज्जातंतूचे विकार, दिसां–जोर, अजीर्ण जावप हांचेर अनंताची मुळां उपायकारक थारतात.

सोरोप, विंचू सारकिल्ल्यांच्या विखाचेर उपाय म्हणून अनंताच्या झाडाचो उपेग जाता. हातुंतलो खंयचोय वखदी उपाय करचे पयलीं जाणकाराचें मत घेवंक जाय.

– सं. मं.

अनंत चतुर्दस–१ : 'अनंत चतुर्दस' हें एक व्रत. म्हूण हाका 'अनंत व्रत' अशेंय म्हणटात. बाकी व्रता प्रमाणे हातुंतूय पूजा, कथा, महानिवेद्य बी कार्यक्रम आसात. तेचप्रमाण हातूंत यमुना–पूजा, नागपूजा बी विशेश विधी आसता. बाकीच्या व्रतांनीं मुखेल देवासंबदान मुर्तीची पुजा करपाक सांगल्या. पूण हातूंत मुखेल देव म्हणून चवदा गांठीचो रेशमाचो दोरो करून ताची 'अनंत देव' पूजा करपाक सांगल्या.

ही अनंत चतुर्दस भाद्रपद शुद्ध चतुर्दशीक करपाची आसता. ही सकाळच्या (पूर्वान्ह) वेळार वा मध्यान (माध्यान्ह) वेळार करपाची आसता.

अनंत चतुर्दस करपाची जागा गायेच्या शेणान सारयतात. एक चौरंग मेज दवरून ताका केळीचे मोखे बांदून मंटप तयार करतात. आनी आंब्या ताळें, फुलांमाळो बी बांदून मंटप सोबयतात. चौरंगाचेर तांदूळ पसरून ताचेर कुंकवान अष्टदल काडतात. न्हंय लागीं आसल्यार न्हांवन–धुवून कलश घेवन थंय वतात. यमुना–पूजन करून कलश भरून घेतात. ताका गंद, कुंकूम लावन वस्त्र गुठलायतात वा न्हेसयतात. मागीर माथ्यार घेवन घरांत सजयिल्ल्या चौरंगाचेर तो कलश दवरतात. परते न्हांवन अनंत चतुर्दसीचे पुजेक बसतात. पुजेक सुरवात करचे पयलीं गेल्या वर्साचे दोरे हाताक बांदून घेतात. कलश पूजेचें पूर्वांग जातकीर कलश पूजा करून ताचेर ताम्हण

दवरून वरूण पूजा करतात. उपरांत मंटपपूजा, पीठपूजा, शेष (सर्प) पूजा करून चवदा गांठीच्या रेशमी दोऱ्यार 'अनंत' देवाचे आवाहन करून ताची पूजा करतात. निवेद्याक तरातरांच्यो भाजयो, पक्वान्नां बी करतात. महारती जावन पुष्पांजली, अर्ध्यप्रदास, प्रार्थना जातकीर पूजेक दवरिल्ले दोनूय दोरे काडून घेतात. तांतलो एक यजमान आपल्या हाताक बांदता जाल्यार दुसरो आपल्या बायलेच्या हाताक बांदता. आनी पयलींचे पोन्ने दोनय दोर काडून घेवन ताटांत दवरून गंद फूल बी ताका घालून ताची प्रार्थना करता. उपरांत ब्राह्मणाक गंद फूल बी दिवन पूजा करता आनी ताका शिदो, पक्वांनां आनी पोन्ने दोरे दिवन ताचो भोवमान करता.

अनंतचतुर्दस – २

कोणाय हे व्रत करता म्हूण हे दोरे मागत जाल्यार ताका हे दोरे दितात, आनी 'फुडल्या वर्सा तूं हे व्रत कर' अशें ताका सांगतात. अशें रितीन नवीन करतल्यान अनंतव्रताची एकेतरेन दिक्षा दिवप जाता. ही दीक्षा घेतले उपरांत चवदा वर्सांनी 'अनंत चतुर्दस' उजोवंक येता. पूण कांय जाण परंपरेन हे व्रत चालू दवरतात. दनपारची महापूजा समाप्त जातकीर चवदा वा एक दांपत्य सांगून तांची पूजा करून तिका तीर्थ प्रसाद दिवन हेरांकय तीर्थ–प्रसाद दिवप आनी मागीर यजमानान आनी घरच्या लोकांनी घेवप. उपरांत समराधना जातकीर सांजे पुराण, किर्तन, पंचोपचार पूजा करून कांय फलहार बी घेवन रातचे भजन किर्तन बी करतात. रात सोंपतकीर परती उत्तरपूजा करून व्रताची समाप्ती जाता. मागीर हाताक बांदिल्ले नवे दोरे काडून दबयेंत घालून देवाऱ्यांत दवरून नित्य ताका गंध फूल घालचें पडटा.

– डॉ. अनंत राम भट

अनंत देवस्थान – सावयवेरें – गोंय :

फोंडे तालुक्यांतल्या सावय – वेरें गांवांतलें देवस्थान. गोंयांतलें श्री अनंताचें तें एकूच देवस्थान. ताची मूळ स्थापना कोणें आनी खंयच्या वर्सा केली हाची नोंद मेळना. पूण श्री अनंत देवाच्या शेषशयनी पाशाणी मूर्तीचें दर्शन घेतकच, हें देवस्थान खूब पुर्विल्लें आसा अशें दिसून येता. आरंभाक वेरें गांव ज्या काळांत लोकांनी बसोवपाचो वावर केलो, त्या लोकांनी त्याच काळांत ज्या ग्रामसंस्थेचें ग्रामदैवत मानलें, त्या श्री अनंत देवताची संस्थापना केली आसूंक जाय.

श्री अनंत देवाचें देवूळ आसा, त्या वाड्याक मदलो वाडो अशें म्हणटात. तें जे भुंयेर वसलां ते भुंयेक 'श्री चे इनाम' अशें म्हणटात. ह्या देवळाची गर्भकूड उदकांतूच आशिल्ल्याभशेन आसा. देवळाकूच तेकून एक फातरांनी बांदिल्ली तळी आसा. श्री अनंत देवत हें मुखेल आसून ताची वांगडी अशीं चार दैवतां आसात, तांची स्थापना वेगवेगळ्या सुवातींनी वेगवेगळ्या वाड्यांप्रमाण केल्या १) श्री शांतादुर्गा दैवत हें श्री शांतादुर्गा देवळाकडल्या 'भाटले इनाम' जागेंत, २) श्री कामिनी देवी, पाळ वाडो, ३) श्री नारायण देव, सावय वाडो, ४) श्री ग्रामपुरुष श्री शांतादुर्गा देवीचे दावेवटेन.

ह्या देवस्थानांत श्री अनंत देवाचो शिबोकोत्सव शुक्ल आनी कृष्ण पक्षाच्या दसमी दिसा रातचो वर्साच्या फक्त णव म्हयन्यांत म्हळ्यार चैत्र, वैशाख, ज्येष्ठ, आश्विन, कार्तिक, मार्गशीर्ष, पौष, माघ आनी फाल्गुनांत जाता. चैत्र म्हयन्यांत श्री रामनम, वैशाख म्हयन्यांत शुल्क पक्षाच्या चतुर्दशी दिसा श्री नृसिंह जयंती, श्रावण म्हयन्यांत सोमार, गोकुळाष्टम, भाद्रपद म्हयन्यांत श्रीमदनंतव्रतोत्सव, आश्विन

म्हयन्यांत विजयादशमी दसरो, कार्तिक म्हयन्याच्या शुल्क दसमीक दीपोत्सव, मार्गशीर्ष म्हयन्यांत शुल्क पक्षाच्या तिथीया तिर्थाक कालो आनी चवथीक गौळणकालो, सांगड आनी पुनवेक श्रीदत्त जयंती हे उत्सव जातात.

शिबिकोत्सवांत श्रीची पालखी खांद्यावेल्यान व्हरपाचो भौमान आनी हक्क फक्त वेरेंकार ऊर्फ 'चाफेभाटकार' हांकांच आसा. तांचें ते कुलदैवत. चंवऱ्यो आनी दिवट्यो धरपाचो अधिकार भट आनी सिंगबाळ ह्या म्हाजनांक आसा. तांचे तें ग्रामदैवत. दर वर्सा मार्गशीर्ष शुक्ल पक्षांतल्या तृतियेक श्री अनंत देवाचो कालो उत्सव जाता. तेन्ना दशावतारी कालो हो लोकोत्सव जाता.

– सं. मं.

श्री अनंतेश्वर देवस्थान – मंजेश्वर : केरळ राज्याच्या कासरगोड जिल्ल्यांत मंजेश्वर थळांत हें देवस्थान आसून, ह्या देवाक भजपी चडावत लोक कर्नाटकांतल्या दक्षीण जिल्ल्यांतले आसात. 'मंजुळ क्षेत्र' ह्या नावांन हें थळ आदल्या काळांत वळखताले.

इसवी सन ०१ त मंजेश्वर प्रदेशाचेर बल्लाळ ह्या जैन राजाचो शेक आसलो. इ. स. ६ ते १३ मेरेन हो प्रदेश अलूप राजाच्या शेखा खाला आसलो. विजयनगरचे राजवटी काळांत हांगा आयल्या संरक्षणाखातीर १६०८ त कोट – किल्लो बांदिल्लो सतराव्या शेंकड्याउप्रांत हांगां मुसलमान, किरिस्तांव हांचो वेपार चलतालो. १७ व्या शेकड्याचे अखेरेक हांगां टिप्पू सुलतानाचीय सत्ता पावल्या.

स्कंद पुराणांतल्या 'मंजुळ महात्म्य' हें ह्या क्षेत्राचें स्थळ पुराण आसा. श्री अनंतेश्वर, भद्रनरसींव, सुब्रम्हण्यु अशीं दैवता एके गर्भकुडींत हांगा विराजमान जाल्यात. मृतिका (रोयण) वरवीं ह्यां थळाक म्हत्त्व प्राप्त जाला. आदीं ह्या थळाक 'शंखमळे' म्हण वळखताले. तिर्थयात्रेर आसताना हांगा पाविल्ल्या विरुपक्ष हाका व्हड धोलींत आशिल्लें अनंत देवाचें लींग आनी भद्रनशींवची मूर्त मेळिल्ली.

कुशस्थळी (गोंय) सावन आयिल्ले गोड सारस्वत ब्राह्मण 'रंगा शर्मा' हाका, ताणें वांगडा हाडिल्ल्या शेषमुर्तीची हांगा स्थापना करून देवूळ बांदचें असो दृश्टान्त जाल्ल्यान, आनी ताणे तेप्रमाण देवूळ बांदिल्ल्यान, श्रीमत् नंतेश्वर स्वामी, भगवान भद्र नरशींव स्वामीं आनी उप्रांत शेषरुपी सुब्रम्हण्यम स्वामी असो हो संगम जावन ह्या तीर्थक्षेत्राची नामना वाडली. धर्म–अग्रहार, मुखेल प्राणमठ, जायते कल्याण मंडप, गीता–मंदिर, आंगडी साळ अशी थंयची मांडावळ आसा. शेषतीर्थ, कण्वतीर्थ, रामतीर्थ, चक्र तीर्थ, मत्स्य तीर्थ अशीं हांगा पांच तिर्थां आसात. देवस्थानाच्या प्राकारांत श्री काशीमठ, आचार्य मठ, भारध्वाज गोत्र हांची वैदीक पाठशाळा आसात. हांगा श्रीमत अनंतेश्वर, श्री नरशींव विग्रह, सुब्रम्हण्यम विग्रह, हेर प्रतिष्ठित पांच दैवतां, आनी गण हांची उपासना, आर्य, वेष्णव, शैव आनी द्रवीड पद्दतीन चलता. विशेश म्हणजे, गौर सारस्वत ब्राह्मण समाजांत हेर खंयकडेन पळोवंक मेळना ती 'मडेस्तान' सेवा हांगा करप जाता. षष्ठी महोत्सवाचे पंचमी दिसा, समराधना जाले उप्रांत जेयिल्ल्या पानार न्हिदून प्रदक्षणा काडटा ते क्रियेक 'मडेस्तान' म्हणटात. धुळी मडेस्तात, पंचमी दिसा सकाळीं चलता. हातूंत बायलां चड संख्येन वांटो घेता.

वर्सभर हांगा सुमार साठेक (६०) उत्सव जाता.



मार्गशिर्शांत जावपी रथोत्सव व्हड दबाजान जाता. १७ अडि रुंदाय, ७१ अडि दिग्गाय आनी ६ चक्रांचो हो ब्रम्हरथ हें ह्या देवस्थानाचें खाशेलेपण आसा. रथोत्सव आनी हेर उत्सवांक योवपी यात्रेकरूंक हांगा रावपाची वेवस्था आसा.

मंजेश्वर, उळ्ळाल, मंगळूर, गुरुपूर, बंटवाळ, मोत्रनाड, आगुम्बे, सोमेश्वर, कार्कळ, उडुपी, कटपाडि, मलपे, कल्याणपूर, कुंदापूर,, तीर्थराजपूर, कुंबळे, तळचेरी, कण्णानूर अशा १८ गांवांचो ह्या देवस्थानाकडेन संबंध येता आसून, देवस्थानाच्या प्रत्येक कार्यांत ह्या गांवचे लोक सक्रीय वांटो घेता. 'श्री मदनंतेश्वर' हायस्कूल, आनी 'नर्सरी स्कूल' ह्या देवस्थानाचेवतीन चलता. ह्या देवस्थानाच्या कारभाराक श्री काशी मठाचें मार्गदर्शन मेळटा.

– **सं. मं.**

अन्नाठी : आदल्या काळांतलें धान्य मेजपाचे एक लांकडी माप. पड म्हजे एक शेर धान्य मापाचें जें

लांकडी माप आसलें, ताचो चवथो वांटो (पाव पड) अन्नाठी ह्या मापान मेजताले. वाटकुळ्या लाकडाचो वेंथभर कुडको घेवंन ताच्या एका पोताकडेन खोल्लावन पाव पड धान्य भरता इतको लाकडाचो गिरोप भायर काडून थंय वाटकुळी सुवात निर्माण करताले. पोंदचो तळ (दुसऱ्या पोताकडलो) दाट दवरिल्ल्यान तें माप बरे तरेन उबें रावंक पावतालें. हेंच वळेरेंतले गिन्नाठी (पडिचो आठवो वांटो), पायली (चार पडी), कुडव (दोन पायल्यो) मुडी (धा कुडव), खांडी (वीस कुडव) ही आनीक धान्याचीं लांकडी मापां आसली. ह्या मापांनी धान्य मेजपाच्यो दोन तरा आसल्यो. एक, कापिची. दुसरी, सुयेची. कापिचे तरेप्रमाण मापाच्या तोंडाकडल्या कांठाबरोबर धान्य मेजप. कांठावयर आयिल्लें धान्य मेजतल्याचे हाताचे शिरेन काडून उडोवप. सुयेच्या मापान मेजताना मापां कांठावयर जितक धान्य थारता तितके मेजप. मापाची कापणी वेवस्थीत जावंची म्हणून मापाच्या कांठाबरोबर मापाच्या तोंडार एक लांकडी वा धातुची बारीकशी आडवी बडी / कांब बसयताले. मापांत धान्य भरलें म्हणटकीर दुसरे एके लाकडाचे तोणयेन मापाच्या कांठावयर आयिल्लें धान्य काडून घेताले. मापार उबें राविल्ले धान्याचे राशिचें तेमूक सुयेसारकें दिसता, आशिल्ल्यान ताका सुयेचें माप म्हणटाले. मापाच्या कांठावयर उबें राविल्लें धान्य हातान वा तोणयेन काडप (कापप) जातालें म्हणून ताका कापीचें माप म्हणटाले. सुयेच्या मापान केल्ले धान्याचे विक्रेचें मोल कापीच्या मापाचे तुळेन थोडें चड आसतालें.

भारतीय संस्कृतींत माप हे वस्तीचें म्हत्व निव्वळ धान्य मेजपापुरतें ना. ताका सांस्कृतीक आनी नैतीक मुल्यय आसा. वर्सांतल्यान, लक्ष्मीपुजनाच्या दिसा पसरकार मापांचीय पुजा करतात. नैतीक नदरेन माप हे विस्वासाचें प्रतीक आसा. मापाकडेन फटींगपणां करचीं न्हय. म्हणजे उण्या मापान धान्य मेजचें न्हय असो नैतीक संकेत आसा. जो कोण हो संकेत पाळिना तो गिरायकाचो विस्वास घात करून आपल्या धंद्याकडेन बेयमानी करता असो समज आसा. त्या नैतीक संदर्भाक धरून मापांसंबंदी कांय कोंकणी म्हणी निर्माण जाल्यात १) 'मापार पाप करचें न्हय.'. (म्हणजे मापार फटोवंचें न्हय) दरेककडेन (मोलाकडेन) वांटपण करचें. मापाकडेन करचें न्ही (दरे संबंधी चड उणें करूं येता. मापासंबंधी करूंक जायना). जाचें माप चोख ताचो वेपार चोख (जाणें मापार विस्वास संपादला ताचो धंदो वाडला.)

पुरक नोंद : मापां

सं. मं.

अनमोड घाट : पळयात : पश्चीम घाट

अनवाळें : धार्मीक, सांस्कृतीक संदर्भ आशिल्ली नितळसाणिची पद्दत. आहारांत (जेवण– खाण) विहारांत (भोवप – घुवप) आनी वापरांत (न्हावप – न्हेसप) हांचेसंबंधी नितळसाणीचे घालून दिल्ले कांय पारंपारीक नेम आसात. ते नेम पाळपांत अनवाळेंपण येता.

घरांत कसलेंय धार्मीक व्रत – उपासना आसता तेन्ना तें व्रत – उपासना शुचिर्भूत अवस्थेंत जावंचें आनी तशें तें केल्यार त्या व्रत – उपासनेची सिद्धता वेवस्थीत जावन, ताचेपासून इच्छीत फल प्राप्ती जाता असो पारंपारीक समज आसा. हाकालागून अनवाळें राखपा खातीर कांय गजाली सक्तीच्यो सांगल्यात. कांय गजाली वर्ज्य सांगल्यात.

सक्तीच्यो गजाली : १) व्रताक बसतल्या तशा

घरच्या हेर व्यक्तींनी, न्हांवन – धुवन घेवचें. धुवन दवरिल्लीं खाशेलीं अशीं अनवाळ्याची (देवकृत्त्या वेळार वापरापाचीं) वस्त्रां न्हेसप. हीं वस्त्रां वंयणेर सुकत घालपाक आनी सुकयल्लीं सकयल काडपाक खाशेली बडी आसता तिका अनवाळ्या बडी म्हणटात आनी ती फकत अनवाळ्यां कपड्यांखातीरच वापरतात. २) अनवाळ्या न्हेसणांत आसताना ते न्हेसतल्यांनी अनवाळ्यांत नाशिल्ल्या मनशांक आफडप वर्ज्य आसा. चुकून अशें आफडप जाले तर ते व्यक्तीक पर्थून न्हावन धुंवन, दुसरीं अनवाळीं वा तीं नासत तर आदीं न्हेशिल्ली पर्थून धुवंन, सुकलें उप्रांत वा सुकचे पयलीं ओलींच न्हेसून व्रताक बसचें लागता. ३) अनवाळे म्हणून मान्य जाल्ले जिन्नसच जेवणा खाणाखातीर वापरप. अनवाळ्या भायले म्हणजे कांदो, लसूण, वाल, दुदी, पोपाय, वायंगें, म्हसकासांगो, कुवाळो, गाजर अशो भाज्यो, चवळी, आवरे, मसूर, अळसांदे अशी कडधान्यां आनी तातयां, नुस्तें, मांस अशें मांसाहारी पदार्थ वर्ज्य सांगल्यात. ४) घर – दार धुवन – पुसून – सारोवन घेवप. देवकृत्याचीं तशीं रांदपा–जेवपाचीं आयदनां घासून – पुसून घेवप. कांय आयदनां आनी आवतां (आदोळी, कोयती) हीं अनवाळ्या वापराखातीरच वेगळीं दवरिल्लीं आसता. कुत्र्या – माजराक पयस दवरप. म्हयनाळ्या भश्टेपणांतले बायलेन अनवाळ्या आनी व्रतापासून कुशीक रावप. सगळ्याच धर्माच्या लोकांमदीं हो अनवाळ्याचो प्रकार चड उणो पळोवंक मेळटा.

वयर सांगिल्लें अनवाळ्यांच्या नेमां फाटल्यान जशें धार्मीक शास्त्र दिसता, तशें कांय समाजशास्त्राचेय अंश मेळटात. न्हावपा – धुवपांतल्यान घाण पयस करून नितळसाण हाडप, भश्टेपणांतल्या दुशीत रक्तास्त्रावांतल्यान किटाणू–विशाणूंचो संसर्ग आडावंप, अशी भलायकेचे नदरेंतली जतनाय हो नेमां फाटलो उद्देश थंय आसपाची शक्यताय न्हयकारूंक जावंचिना.

आधुनीक काळांतले जिवीत – पद्दतींत आनी विज्ञानीक मानसिकतेंत खरपणान अनवाळें पाळप शक्य जायना आशिल्ल्यान, लोक आतां तें सदळपणान पाळूंक लागल्यात. एकदां न्हालेउप्रांत आफूड – भश्ट जालें तर पर्थून न्हायनासताना, हात पांय धुवपापुरते करप जाता. शारां परस अनवाळें पाळप गांवांनी चड प्रमाणांत उरला आसलें तरी ल्हव ल्हव करून हांगांय अनवाळ्याचे नेम सदळ जायत आसात.

– डॉ. अनंत राम भट

अनस : (कन्नड : अननस, गुजराती : अननस, मराठी : अननस, तेलगु : अनस, बंगाली : अनारश, संस्कृत : अनन्नास, हिंदी : अननस, इंग्लीश : पाइन ॲपल, शास्त्रीय नांव : अननस कोमोसस, कुळ : ब्रोमेलिएसी).

अनूसाचे झाड ५० – १०० सें. मी. उंच जमीनींत वाडटा. जमनीवयर खोड सुमार २०–२५ सें. मी. वाडटा, आणि ७–१० सें. मी. जाड आसता. खोडाचो चडसो भाग पानांनी धापिल्लो आसता. पानां जाड आनी तलवारीच्या आकाराची देठ नाशिल्लीं आसता. पानाचे कडेक खरवतीप्रमाण कांटे आसता. कांय जातीच्या पानांक कांटे कमी आसता. पानांची लांबाय ९०–१५० सें. मी., जाल्यार रुंदाय २.५ ते ६.५ से. मी. इतकी आसता. अनशिच्या झाडांक निळसर रंगाचीं फुलां येतात. फळांचे वजन सरासरी

१.० ते २.५ किलो आसता.

अनशिचो उगम पाराग्वे ह्या देशांत जाला म्हणपाचे पुरावे सापडटात. साधारणपणान १५४८ ह्या सालांत अनस भारतांत पावलें म्हणपाची नोंद आसा. मेक्सीको, फीलीपाईन्स, थायलँड, चीन, अमेरीका, ब्राझील ह्या देशांनी अनसाची लागवड मोठ्या प्रमाणांत जाता. भारतांत उत्तरपूर्व राज्यां, पश्चीम बंगाल, महाराष्ट्र, कर्नाटक उतर प्रदेश, आंध्र प्रदेश, तामीळनाडू ह्या राज्यांनी मोठ्या प्रमाणांत लागवड करतात. गोंयांत कांय वर्सांफाटीं फकत थळाव्या जातीची अनसां लायताले, हालींतेंपार, सुधार जातींची अनसां मिश्रपीक म्हूण भाटांनीं, कुळागरांनी शेतकार रोवपाक लागल्यात. गोंयच्या पोरसांनी हें पीक झाड लायता.अनसाच्यो जाती खूप आसात. तातुंतल्यो जायन्ट क्यू, जायन्ट क्वीन आनी मॉरीशस ह्यो जाती चड करून रोयतात. गोंयांतय ह्याच जातींची लागवड चड जाता.

अनसाचे पीक २२ ते ३५ से. ग्रे. तपमानांत बरे तरेन जाता, तशेंच दर्यादिगेपासून ११०० मिटर उंचायेमेरेन हें पीक जावपाक शकता. अनसाक हलकी जमीन मानवता. अनसाची लागवड चड पावसाचे दीस सोडल्यार हेर खंयच्याय दिसांनी करपाक जाता. पूण ऑक्टोंबर–नोव्हेंबर ह्या म्हयन्यांनी केल्यार चड बरी जाता. अनसाच्या खोडाकडल्यान जें फुटवे येतात तांकां 'सकर' अशें म्हणटात. अनसां लावपाखातीर सकराचो वापर करतात. अनसाची लागवड चरी मारून ६०x१५ सें. मी. अंतराचेर लायतात. अनसाच्या पिकाक हेक्टरी ६ नत्र तशेंच पोटेश हीं अन्नद्रव्यां वापरतात. ह्या पिकाक बरीच नडणी येता. वेळोवेळ नडणी काडून पीक साफ दवरतात. अनसाक उदक खूप कमी लागता. १५ दिसांनी एकदा उदक



दिल्यार पुरो जाता.

अनस लायल्याउपरांत १२–१३ म्हयन्यांनी फुलतात, त्याउपरांत ५–६ म्हयन्यानी फळां तयार जातात. तन्न्या फळांचो रंग पांचवो आसता. फळाक आंगभर दोळे आसता. फळांचो रंग थोडो हळडुवोसार जालो म्हण्टकच फळ तयार जालें म्हण समजतात. सर्वसादारणपणान जानेवारी – फेब्रुवारी म्हयन्यांत अनशीक फुलां येतात आनी मे – जून म्हयन्यांत फळां तयार जातात.

कांय संजीवकांचो वापर केल्यार अनस केन्नाय फुलूंक – फळूंक शकता. अनसाचे हेक्टरी ७०–९० टन उत्पन्न मेळटा.

अनसाक कीड आनी रोगाची व्हडलीशी बाधा जायना. पूण केन्नाकेन्नाय 'मिलीबग' किडीची तशेंच 'हार्टरोट' ह्या रोगाची लागण जावपाची

शक्यता आसता. 'मिलीबग' ही कीड शेपांतल्यान रोस चोरवता. ताकालागून झाड सुकून मरता. हे किडीआड थीमेट १० जी हे वखद हेक्टरी २० किलो ह्या प्रमाणांत वापरतात. 'हार्ट रोट' ह्या रोगाची लागण जाल्यार अनसाचो मध्यभाग असता. हो रोग जाव नये म्हण सकर लावचे पयलीं बावीस्टीन ह्या वखदाच्या द्रावणान बुडोवन वापरतात.

पिकें अनस गोड आनी पुश्टीक आसता. फळांत 'अ' आनी 'ब' जिवनसत्वां चड प्रमाणांत आसता. फळांत लोखण, मॅगनेशीयम आनी कॅलशीयम हीं खनिजां आसता. फळांपासून जॅम, जेली, हालवो आनी तोंडाक तयार करतात. अनसाच्या पानांत जीं किसरां आसता, ताचेपासून, साक, राजु, पोतयो, जमखणां, कागद तयार करतात. अनसाचें फळ, पानांचो वखदी उपेग जाता.

– **विश्राम गांवकार**

अनसाचें तोंडाक : साहित्य : १/४ कि. चण्याची दाळ, १ पिकिल्लें अनस, १ नाल्लाची सोय, १५ वड्यो (कुंवाळ्याच्यो), फोण्णांपुरतो हिंग आनी सांसवां, २० पणसाची फोडिल्लीं भिकणां, ६ मिरयां, १० सुक्यो मिरसांगो, मूठभर कोथमिऱ्यो, १ चमचो आमटाण, रूचीपुरतें मीठ, गॉड, १ चमचो तेल, उदक.

पिकिल्ल्या अनसाच्यो मध्यम आकाराच्यो फोडी कापून दवरच्यो. तव्यार घातिल्लें अर्द चमचो तेल तापतकच वडयो भाजून घेवच्यो.

मिरसांगो, मिरयां आनी कोथमिऱ्यो सुक्यो बाजच्यो आनी सोयेंत आमटाण घालून सोय वांटून घेवची.

तीन अर्द्या पेल्यांतल्यान उदकांत चण्याची दाळ शिवोजची. दाळ शिजतकच तातूंत भिकणां शिजोवचीं. भिकणां शिजतकच अनसाच्यो फोडी शिजोवच्यो. वांटिल्ले वांटप, गॉड आनी मीठ तातूंत घालचें. भाजिल्ल्यो वडयोय तातूंत घालच्यो आनी बरो खतखतो काडचो.

गॅसावेल्यान सकल काडून उरिल्ल्या तेलांत ताका हींग आनी सांसवांची फोडणां घालचीं.

– **सं. मं.**

अनसाचें लोणचें : साहित्य : २ पिकिल्लीं अनसां, १ व्हडलो चमचो मिरसांगाचो पिठो, हिळडिचो पिठो, शंकर छाप हींग, १/२ कि. गॉड, रूचीपुरतें मीठ.

गॉडाचें मेल करून, तातूंत शिनिल्ल्या अनसांचे बारीक कुडके शिजोवचें. तातूंत मिरसांगाचो पिठो, हळडिचो पिठो, हींग आनी मीठ घालून सगळें बरें वरभर शिजोवचें आनी चाळीत रावचें. दाट जातकच उज्यावेले सकयल काडचें.

– **सं. मं.**

अनसाचो शॅक : पिक्या अनसाच्यो साली काडिल्ल्यो फोडी दूद, झेल आनी साकर मिक्सरांत घालून पिळून काडल्या उपरांत अनसा रोस , दूद, झेल आनी साकरेचें पातळ रसायन जाता, ताका अनसा शॅक म्हणटात. गर्मे दिसांनी हो शॅक तान भागोवपाक बरो उपकारता. शारांनी अनसा शॅक करून दिवपी मांड आसता.

– **सं. मं.**

अनसाचो हालवो : पिक्या अनसाचे शिरो करून ताच्यो मदल्यो मावो काडून तें किसनीचेर किसचें.

साली मेरेनचो गर किसून काडून जातकीर, किसवप थांबोवन, साल भायर उडोवची.

आयदनांत कीस घालून आयदन गॅसार दवरून धवळीत रावचें. गराचे रोस आटून रोस गलगलीत जालो म्हणटकीर तातूंत साकर घालची. आनी ती विर म्हणसर धवळचें. तातूंत मागीर वेळच्यो धाडावन जाल्लो पिठो घालचो. आयदन उज्यावयलें देवोवन हालवो थंड जालो म्हणटकीर तो खावपाक तयार जालो अशें समजून बरणेंत भरून दवरचो.

– सं. मं.

अप्पया : (जल्म – १७ वो शेंकडो, भटकळ, कर्नाटक; मरण – भटकळ, कर्नाटक)

नामनेचो संत कवी जावन गेलो. कर्नाटकांतलो कोंकणी मनीस. संत अप्पया हाचें पुराय नांव लक्ष्मण रामचंद्र नाडघर. १७ व्या शेंकड्याच्या दुसऱ्या अर्दांत उत्तर कर्नाटकांत भटकळ ह्या गांवांत ताचो जल्म जालो. अप्पयाक ल्हान पिरायेचेरूच परमार्थाची रूच लागिल्ली. संवसारातल्या सुखांचेर ताचें मन निखालूस नाशिल्लें. तो आपलो सगळो वेळ एकले – एकसुरें, किण्ण सुवातेर सारतालो. ताणें संवसारांत घुस्पावन रावचें हेखातीर ताच्या बापायन भागिरथीबाय नांवाचे एके चलयेकडेन ताचें लग्न करून दिलें. पूण संवसाराची रूच ताका लागली ना. भटकळ हांगाच्या चेन्नपट्टण हनूमंत नांवाच्या देवळांत तांकां बैलूर मठांतलो विमलानंद नांवाचे एक साधू मेळलो. ताचो तो शिश्य जालो. बैलूर हो गांव भटकळसून सुमार चार कोसांचेर आसून थंय मार्कंडेयाचें देवूळ आनी लागींच मठ आसा. विमलानंदाचे शिश्य जातकूच, अप्पयाक चोंयवशीन अद्वैत दिसूंक लागलें. तो संवसार आनी आपूण एकूच लेखूंक लागलो. कांय वर्सांनी ताची बायल भायर पडली. उपरांत थोड्याच म्हयन्यांनीं ताचो बापूय भायर पडलो, आनी निमाणें, ताची आवय भायर पडली. अशे तरेन मायेच्या जवंजाळांतसून तो सामकोच मेकळो जालो. ताणें भटकळचें कुळकर्ण आपले भाव मंगेश हाचें सुवादीन करून तो तिर्थयात्रेक गेलो. तो भोव बरो कवी आसून ताणें भक्ती, गिन्यान आनी वैराग्य हांचेर जायतीं पदां रचलीं. तीं पदां सगळीं बैलूर मठांत आशिल्लीं. पूण मठाक उजो लागून थंयचीं पुस्तकां लासलीं आनी तांचे भरशीं अप्पयाच्या पदांचीय वाट लागली. अशे तरेन, लोकांच्या तोंडांत जीं पदां घोळटालीं तितलींच फाटल्यान उरलीं. तो भोव बरो वादक आनी गवय आशिल्लो. ताका मुरदंग, तबलें, तंबारो, सारंगी, रुद्रविणा आनी हेर मंजूळ वाद्यां कुशळतायेन वाजोवंक मेळटालीं. तंजूवर हांगा भोवून ताणें थंयची संगीत विद्या शिकून घेतली. ल्हानपणांत तो हुशार तिरमारो आसून ताचो नेम केन्नाच चुकनासलो. ताणें आपल्या तेजाच्या बळान जायते चमत्कारूय केले अशें म्हणटात. धर्मस्थळाच्या मंजुनाथ देवळाचो कमाविसदार वरदय्या हेगडे हाचें फुटिल्ले दोळे ताच्या प्रसादान सारकें जाले अशी वदंता आसा. हेवेळार बेदनूर संस्थानांत पयलो बसप्प नायक (१६९७–१७१४) राज्य चलयतालो. ताणें अप्पयाची कीर्त आयकून ताका आपल्या राजपाटणांत मोठ्या माना–भोवमानान आपयल्लो. तेन्ना ताणें थंयचे थंयच एका पदांत सगळें रामायण तांत्रीक रितीन रचून तें राजाक ओपलें. तें वाचून, राजाक खोस जाली. ताणें ताका 'वरकवी' (वर आशिल्लो कवी) ही पदवी दिवन ताचो भोवमान केलो. ताणें कोंकणी, कानडी आनी

तेलगू ह्या तिनूय भासांनीं कविता रचल्यात. तो भटकळ हांगा भायर पडलो. पूण खंयच्या वर्साक तो भायर पडलो हाची म्हायती मेळना. ताची पुण्यतिथ कार्तीक वद्य चवथी दिसा पडटा. ताची समाधी भटकळा आसा. तिचेंर उमामहेश्वर लिंगा थापून देवूळ बांदलां, ताका नाडघट देवूळ वा समाधिमठ म्हणटात. ताचें समाधी लागसार ताच्या तंबोऱ्यांचो मोडको कुडको दवरला. अप्पया हाची भावजय शांताबाय, एक नामनेची संतीण, तिणें आनी हल्याळचे वेंकटबाब नाडकर हाणें १९०० वर्सा सुमार तें देवूळ परत बांदलें.

– अरुण उभयकार

– सं. मं.

अपरान्त : अपरान्त म्हणजे सह्याद्री पर्वत आनी अरबी दर्या मदलो आंतरप्रदेश वा आंतरप्रांत. भारताच्या पश्चीम देगेवयल्या कोंकण प्रदेशाक अपरान्त ही उपाधी लागू जाता अशें जाणकारांचें मत आसा. विशेश करून उत्तर कोंकणांतल्या गोकर्णासांवन, दमणगंगेमेरेन ह्या अपरान्त प्रदेशाची व्याप्ती मानून घेतल्या. कोंकण हें नांव घोळणुकेंत येवचे पयलीं, हो प्रदेश अपरान्त ह्याच नांवान वळखताले. ख्रिस्ती सनाच्या सव्या शेंकड्यांतल्या वराहमिहिराची बृहत्संहिता (चौदावो अध्याय), वात्सायनाचें कामसुत्र, महाभारत (आदिपर्व, भीष्मपर्व), हरिवंश, विष्णु पुराण आदी संस्कृत ग्रंथांनी 'अपरान्त'चो उल्लेख मेळटा. आदल्या काळांत अपरान्तचो शुर्पारक देश वा शुर्पारक क्षेत्र असोय केल्लो उल्लेख मेळटा (रघुवंश). सुमेरी भाशेंत शुर्पारक म्हळयार 'सुर्यास्ताचो दर्यावेलो दरवटो' असो अर्थ जाता. अपरान्ताची भुगोलीक मांडावळ पळयंल्यार हो अर्थ जुस्तांत जुस्त ताका लागू जाता.

भारताचे पूर्व देगेचे निर्मितीचो संबंध अगस्ती रुशीकडेन लायता. तेच प्रमाण पश्चीम देगेचे निर्मिती संबंधीची आख्यायिका परशुरामाच्या नांवाचो संबंध जोडटा. परशुरामान पराक्रमान जोडिल्ली भूंय दान करतकीर स्वताक रावपाखातीर ताका जेन्ना भुंयेची गरज पडली तेन्ना ताणें भारताचे पश्चीम देगेवयल्या दर्याक आपल्या अस्त्रांच्या (बाणाच्या) आदारान फाटीं सारलो. आनी दर्यापोंदा बुडिल्ली भूंय ताणें वसयली अशी आख्यायिका आसा. ही दर्या फाटीं सारून निर्माण जाल्ली भूंय म्हणजे अपरान्त आसा अशें समजप जाता.

अपरान्त आनी भगवान गौतमबुद्ध आनी बौद्धधर्म हांचो संबंध दाखोवपी जायते पुरावे उपलब्ध जाल्यात. सम्राट अशोक हाणें बौद्ध धर्माचो उपदेश करूंक बौद्ध उपदेसांक धाडिल्ल्या प्रदेशांमदीं 'अपरांत'चो उल्लेख (पांचवी धम्मलिपी) मेळटा.

बुद्धाचो शिश्य आशिल्लो पूण्ण ह्या गोंयकाराचे विनंतीक मान दिवंन, गौतमबुद्ध आपल्या भिक्खुंसयत चंदन – मंडल नांवाच्या बौद्धविहारांत रावूंक आयलो. आनी थंय ताणें जायते दीस खूप लोकांक धर्माचो उपदेश केलो अशी माहिती लंकेंतल्या सिंहली भाशेंतल्या 'अमावतुर' पुस्तकांत मेळटा. 'महावंश' नांवाच्या पाली भाशेंतल्या एका वीर काव्यांत, अशोकाचे राजवटींत उपदेशक तिस्स हाणे बौद्ध धर्माच्या प्रसाराचें काम अपरान्तांत केला म्हटलां. 'दीपवंसां' तय अपरांताचो उल्लेख आसा.

– सं. मं.

अफगाण मेमोरियल चर्च : पयल्या अफगाण झुजांत सुमार १६,००० ब्रिटीशी सैनिकांनी आपलो जीव वगडावंचो पडिल्लो. तांकां आर्गां ओंपपाचें यादस्तीक म्हणून हे चर्चीची बांदावळ केल्ली. ब्रिटीश सैनिकांवांगडाच, मुबंय आर्मी, मद्रास आर्मी आनी लाहोरची रणजीत सिंग आर्मी हांचेय यादस्तीक म्हणून हे इगर्जेचो संदर्भ येता. सुर्वेक ही चर्च तेवेळार 'सीक बंगलो' (आताचें भारतीय नौदलाचे आश्विनी हॉस्पीतल) म्हणून वळखुपी सुवातेर एक ल्हानशें कपेल आसलें. आनी ताची अवस्था सामकी सादे तरेची आसली. उपरांत ब्रिटीश सरकारान सद्याचे सुवातेर इगर्ज बांदपाखातीर जमीन दिली, ती दितांना एक अट घाली की, हे इगर्जेचें तेमूक (कळस) इतक्या वयर काडचें जें मुंबय बंदरांत योवपी जहाजांक मार्गदर्शक (दीपस्तंभासारकें) जातलें. मुंबय शाराचो तेन्नाचो अभियंतो हेन्री कोन बेर हाणें इगर्जीचो वास्तुकला आराखडो तयार केल्लो. १८४७ त हे इगर्जेचें काम सुरू जालें आनी १८५८ त पुराय जावन ७ जून १८५८ दिसा बिशप हार्डींगच्या हातान चर्चीचें धर्मीकरण जावंन सँट जॉन बाप्तीस्ताक ही चर्च अर्पण केली.



उप्रांत अटीप्रमाण १८६५ त तेमूक (कळस) बांदून जालें. गोथीक वास्तुकलाशास्त्र सोबीत काळी सया मारपी आरशांची जनेलां, गाभारो आनी सरवळी, १९८ फूट उंचीच्या घांट - घुडावयल्यो, १९०४ त इंग्लंडाच्या टेलर बेलफावंड्रींत तयार केल्ल्यो व्हडल्यो आठ घांटी, डोरीक पद्यतीचे खांबे अशीं कांय खाशेलींपणां हे इगर्जेंत पळोवंक मेळटा.

– जे. बी. मोरायश

अबदागीर : एक निशाणी. आदल्या काळांत राजा आपल्या दरबाऱ्यांसयत जेन्ना राजवाड्याभायर भोंवडेर वा सैनिकांक घेवन झुजामळार वतालो, तेन्ना ताचे वांगडा वचपी लोक दरबारी वा सेवक त्या राजाच्या राज्याचीं वंश परंपरेन चलिल्लीं राजचिन्नां आशिल्ल्यो निशाण्यो घेवन वताले. ह्यो निशाण्यो त्या राजाची तशी राज्याची वळख आसताली. आदल्या काळांत जेन्ना राजेशाय चलताली तेन्ना दर एका राज्याची आपली अशी खाशेली वळख आशिल्लीं राजचिन्नां आसतालीं. हीं चिन्नां म्हणजे राजाच्या धर्माची वा ताच्या कुळाची वा कुळदेवाची वा उपासना दैवताची प्रतिमा आसताली. अशीच एक निशाणी धारण केल्ली वस्त म्हणजे अबदागीर आसा.

ही वस्त चडशी बदामी आकाराची आसता आनी तिचें तोंक वयर आनी बसका सकयल उरतली अशी तरेन ती लांब सरळ लाकडी बडयेच्या तोंकार बसयता.

रथाचेर लायिल्लो अबदागीर

हे बडयेचें सकयलें तोंक अबदागीर धरपाच्या मुठींत उरता आनी वयल्या तोकांकडची अब्दागीर निशाणी वयर हवेंत उरता. कापड वा कागद हांचेपासून तयार केल्लें ह्या अबदागिराचेर चिन्न तशें ताचे भोवतणी नक्षीकामं करून तो जाता तितलो आकर्शक करता. तेखातीर रंगीबेरंगी कापड, कागद आनी धातूं – मणयांचो लेगीत वापर करता.

कोंकणांतल्या भोवतेक देवळांनी अशे अबदागीर आसता आनी ते पालखेंत बसिल्ल्या वा रथार बसिल्ल्या देवाची मिरवणुक चलता तेन्ना तांच्या मुखार अबदागीर घेवन चलता आनी, वाजपाच्या तालार तांकां हवेंत नाचयता. अशावेळार अबदागिरांवांगडाच कपड्याचे लांबोडे फुगे, गुडयो घेवनय लोक तांकां नाचयता. कोंकणांत वीरभद्र ह्या झुंजारी स्वरुपाच्या लोक नाचांत, वीरभद्राची भूमिका करपी दोनय हातांनी दोन तलवारी, माथ्याक मुकूट आनी फाटीक अबदागीर बांदून नाच करता.

कोंकणांत जंय देवाच्या रथाक गुडयां वांगडा अबदागीर लायता थंय, रथोत्सव सोंपलेउप्रांत अबदागिराची पावणी करता. ती देवाची निशाणी मानून, भावीक लोक पावणेचे चडांतचड बोलिचे पयशे देवस्थानाक दिवंन अबदागीर व्हरून आपल्या घरांत वण्टीक लायता.

– सं. मं.

अभिशेक : दैवतांक (देवांच्या मुर्तीक) घालता तें न्हाण. 'अभि' म्हटल्यार 'वयल्यान' आनी 'शेक' (षेक) म्हणजे 'शिंपप' अशा संस्कृत अर्थावयल्यान हे क्रियेक हें उतर मेळला.

जशे तरेन मनशाचे कुडिचे आहार – विहार आसता तेच परीन देवाचे कुडिचेय (मुर्तेच्या रुपान)

आहार - विहार करपाची सगळ्यांच धर्मांत प्रथा आसा. हे प्रथेप्रमाण, मनशा सारखेंच देवाकय न्हांण, न्हेसण, जेवण (निवेद्य) शयन (न्हिदप) विहार (पालखी- लालखी-रथ- सांगोड) अशो विधी करता. अभिशेक ही एक असली विधी आसा.

देवाक अभिशेक करपाखातीर दूद, धंय, तूप, गंद, म्होंव, गॉड, साखर अशा जिनसांवरवीं अभिशेक करप जाता. काळभैरव, मारूती अशा दैवतांखातीर तेलाचो अभिशेक करतात. अशा जिनसांवरवीं अभिशेक जातकर, निमणो उदकाचो अभिशेक करून, देवाचे आंग घासून - पुसून घेतात.

अभिशेक अभिशेक - पात्रांतल्यान म्हणजे तांबयो, शंख, चिपट वापरून करता. देवळांनी देवाच्या माथ्यावयर थारीवक उंचायेर बुराख आशिल्लें अभिशेक पात्र लांबयता आनी तातूंत अभिशेकाचे जिन्नस घालून ताची धार देवाचे मुर्तेर सोडटा. ह्या पात्राक धारा पात्र म्हणटात. अभिशेक चलतांना स्तोत्रां, मंत्र, नामस्मरण करपाच्यो धार्मीक विधी चलता.

देव देवतां भायर, व्रतां - पुजेवेळार, व्रत - पुजा पुर्ती जाली म्हणटकीर व्रताक बसपी यजमान - यजमन्न, घरचीं हांच्या माथ्यार, दुर्वा वा आंब्या पाना उदकांत बुडोवन पुरोयत उदक शिंवरायता. लग्न सुवाळ्यांत कन्यानादावेळारय न्हवरो - व्हंकल आनी दोनयकडचे यजमान - यजमान्नीच्या माथ्यार उदक फांफडप जाता. राजाचो राज्याभिशेक करताना वा देवाची प्रतिष्ठापना करताना पवित्र न्हंयांचें उदक हाडून ताचो राजाक देवाक अभिशेक घालता.

- डॉ. अनंत राम भट

ह्या शब्दाचो अर्थ संस्कृतांत सभोवतीं सगळे 'अभिशेक' वटेन शिंपप असो जाता. पवित्र तीर्थांचें

न्हाण असोय ताचो अर्थ जाता. वेदकाळांत राजाक जेन्ना राज्याचें अधिकार पद दिताले तेन्ना तरेकवार मंत्र गावन राजाच्या माथ्याक उदक शिंपून ताका शुद्ध करताले. हे विधीक 'अभिशेक' अशें म्हणटाले. अभिशेकाचे मंत्र म्हणटना, 'इंद्र, वरुण, अश्विदेव आदी देव देवतांच्या बळग्यांचो हो अभिशेक हांव करतां.' अशें पुरोयत म्हणटाले.

पुर्विल्ल्या काळांत फकत राजांचोच अभिशेक जातालो. भारताभायर कांय देशांनी रगताचो अभिशेक करताले आनी ताका लागून कुडींत ताकद तयार जाता अशे मानताले. महाभारतांत सम्राट आनी महाराना हांच्या अभिशेकाचें वर्णन आयलां. भारतीय झुजा उपरांत युधिष्ठिराक अभिशेक जाल्ल्याचें वर्णन महाभारतांत आसा. (शांतिपर्व : ४०.२४). वनवासाक सांवन परत येतकच प्रभू रामचंद्राक

केल्ल्या अभिशेकाचें वर्णन कालिदासान एका श्लोकांत अशें केलां :

सरित्समुद्रान् सरसीश्च गत्वा
रक्ष : कपीन्द्रैरूपपादितानि।
तस्यापतन् मूर्ध्नि जालानि जिष्णो
र्विन्ध्यस्य मेघप्रभवा इवाप :॥

(रघुवंश : १४.८)

अर्थ : 'राकेसांच्या आनी वानरांच्या मुखेल्यांनी वेगवेगळ्यो न्हंयो, दर्या, तळीं हातूंतल्यान हाडिल्लें उदक विंध्य पर्वताच्या माथ्यार कुपांतल्यान पावस पडचो त्याच प्रमाण प्रभू रामाच्या माथ्यार पडलें.' सम्राट अशोकान कलिंग जैता उपरांत चार वर्सांनी आपलो राज्याभिशेक करून घेतिल्लो. फुडें - फुडें आमात्य, राजे आनी राजपुरोयत हांचोय अभिशेक जातालो अशें हर्षचरित्रावेल्यान दिसून येता. 'पुण्याभिषेक' नांवाच्या आनीक एका अभिशेकाचें सविस्तर वर्णन अथर्वपरिशिष्ट ४, बृहतसंहिता आनी कालिका पुराण ह्या ग्रंथांत आसा. ह्या विधीचे खाशेलेंपण म्हळ्यार चंद्र - पुष्य हांच्या योगाचेर हो अभिषेक करताले. ह्याच योगावरवीं इंद्रान असुरांचेर जैत मेळयल्लें. बौद्ध कल्पनेप्रमाण बोधिसत्वाचे युवराज्याभिशेक आनी अभिनिष्क्रमण ह्यो दोनूय घडणुको ह्याच योगाक लागून घडल्यो.

वेदकाळांतल्या अभिशेकाची सादारण पद्धत अशीः अभिशेकाच्या आदले दिसा राजा विधीयुक्त न्हाण घेतालो. अभिशेकाच्या वेळार वा पयलीं तो आपले मंत्री वेचून काडटालो. राणी, धवो सुणो, धवो बैल, धवें छत्र आनी चामर (चंवरी) हीं राजरत्नां घेतालो. भांगाराचें शिवांसन नाजाल्यार भद्रासन तयार करून तें वागाच्या चामड्यान धांपताले. सातसमुद्रांचें उदक, म्होंव, दूद आनी धंय ह्या जिनसांनी भरिल्लो भांगराकलश शिंवासनाकडेन दवरताले. अभिषेकाचें हेर सामान अशें : वड, रूमड, पिंळ आनी केळ ह्या झाडांच्या लाकडांपसून तयार केल्लीं आयदनां, कांग आनी सवाद ह्या कड्डणाचीं कणसां, रूमडाची बाज, चमच्याच्या आकाराचें एक यत्रपात्र आनी ताळी.

राजा राणयेवांगडा आपल्या शिवांसनाचेर बसतकच पुरोयत मंत्र म्हणून रूमडाचे ताळयेन उदक, दूद, धंय, म्होंव हांचो अभिषेक करतालो. पुरोयता वांगडा हेर ब्राह्मण, मंत्री, सोयरे, प्रजानन राजाक अभिशेक करताले. उपरांत राजा इंद्राचें स्तवन करतालो. पुरोयत, उपाध्याय हांकां तो दक्षिणा दितालो. मागीर शांतीमंत्राचे पाठ जाताले. अग्निपुराण आनी मानसार हातूंत अशें सांगलां, की राजा राजधानीच्या नागराक एक प्रदक्षिणा घालतालो आनी मागीर अभिशेक सुवाळो सोंपतालो. अभिशेकावेळार राज्यांत सुवाळ्याक खोस मनयताले आनी कैद्यांक मुक्त करतालें. अशेच तरेन महाराष्ट्रांत शिवाजीन काशीचो नामनेचो विद्वान गागाभट्ट हाचेकडल्यान आपलो राज्याभिशेक करून घेतिल्लो. तेन्ना भारतांतल्या पवित्र न्हंयांच्यो उदकांत ताका अभिशेक घातिल्लो.

पुर्विल्ल्या काळांत किरिस्तांव राजे पोपाकडल्यान राज्याभिशेक करून घेताले. किरिस्तांव धर्मांत तेलान वा उदकान अभिशेक करतात. इब्री उतर 'मसीह' आनी ग्रीक उतर 'ख्रिस्त' हाचो अर्थूच 'अभिषेक जाल्लो' असो जाता. जेजूचो अभिशेक पवित्र आत्म्याच्या बळग्यान जाल्लो अशें मानतात.

देवाचे नवे मुर्तीची थापणूक करतना तिका अभिशेक करपाची पद्धत आसा. देवाच्या षोडशोपचार पुजेंत पंचामृत न्हाणाउपरांत महाअभिशेक करतात. हो अभिशेक करतना शिवाखातीर रूद्राध्याय,

विष्णूखातीर पुरुषसुक्त वा पवमान पंचसुक्त, गणपतीखातीर गणपति – अथर्वशिर्ष, देवीखातीर श्रीसुक्त आनी सुर्याखातीर सुर्याचीं सुक्तां म्हणटात.

कर्नाटकांतल्या, श्रवणबेळगोळ हांगच्या गोमटेश्वर पुतळ्याक दर पंदरा वर्सांनी दुदाचो मस्तकाभिशेक करतात. तेन्ना हांगा व्हड उत्सव जाता आनी लोक व्हडा संखेन जमतात. गोमटेश्वराचो पुतळो व्हड आकाराचो (५७ फूट उंचाय) आशिल्ल्यान ताच्या अभिषेकाक शेंकड्यांनी कळसो दूद लागता.

– सं. मं.

अभिषेकी, जितेंद्र : (जल्म : १५ सप्टेंबर १९३२, मंगेशी, गोंय : मरण : ८ नोव्हेंबर १९९८, पुणे, महाराष्ट्र)

जितेंद्र अभिषेकीचें पुराय नांव जितेंद्र बाळुबुवा नवाथे. श्री मंगेश देवाची सेवा अभिषेकाचे रुपान करीत आयिल्यान ताच्या घराण्याक 'अभिषेकी' ह्या नांवान वळखुपाक लागले. ताचो बापूय बाळुबुवा अभिषेकी, एक संगिताचो जाणकार, एक श्रेष्ठ असो कीर्तनकार म्हण ताका वळखताले. घरची संगिताची परंपरा मेळिल्यान ताची आवड निर्माण जावन तो संगीत कलेकडेन आकर्शीक जालो.

ल्हानपणासावन संगिताची उपाट ओड आशिल्ल्यान, आपूण एक म्हान गायक जातलो, हो हावेस ताणें आपल्या मनांत पक्को दवरलो.

शास्त्रीय संगीत खोलायेन शिकपाची उमळशीक आशिल्ल्या जितेंद्रान आपल्या बापायकडच्यान मुळावें मार्गदर्शन घेतलें उपरांत, सौ. गिरिजाबाय केळेकार हिचेकडेन संगिताचें फुडलें शिकप घेवपाखातीर तो बांदोड्यां वचपाक लागलो. सौ. गिरिजाबायकडेन गाणे शिकता आसतनाच ताणें इंग्लीश शिकपाक सुरवात केली, आनी तो मॅट्रिक पास जालो.

शास्त्रीय गायनाची फुडली साधना करचे खातीर तो पिरायेच्या १५ वर्साचेर पुण्याक गेलो. थंय नरहर बुवा पाटणकार आनी यशवंतराव मराठे हांचेकडेन तो गाणे शिकलो. तशेंच तो मागीर बेळगांवाक गेलो आनी थंय नामनेचे पेटीवादक विठ्ठलराव कोरगांवकडल्यान संगिताचे शिक्षण घेतलें.

ताचे उपरांत तो मुंबयक आयलो. थंय मास्टर नवरंग हांचेकडेन देड वर्स नाट्यसंगीत शिकलो. तशेंच तांचे महाविद्यालयाचें शिक्षणय चालू आशिल्लें. आनी संगितावांगडाच कांय तेंपान ताणें मुंबय विद्यपिठांची बी. ए. ची पदवी मेळयली.

१९५९ ह्या वर्सा शास्त्रीय संगिताच्या योगदानाखातीर ताका भारत सरकाराची शिश्यवृत्ती मेळ्ळी. उपरांत तो नामनेचो गायक जगन्नाथ पुरोहित हाचेकडेन तालीम घेवपाक लागलो. तशेंच ताणें गुलुबाय जसदनवालांकडेन जयपूर घराण्याच्या

गायनांची खाशेलींपणां शिकून ती आत्मसात करून घेतलीं.

सुंदर, प्रभावीत आनी रमणीय अशे गावपी अभिषेकी, त्याच पद्धतीन नाट्यगीतां, अभंग, भावगीतां, ठुमरी, दादरा, कजरी, टप्पा अशे कितलेशेच प्रकार तो सहजतायेन सादर करतालो. स्पश्ट उच्चारण पद्धतीन आनी विशिश्ट शैलींत तो अभंग गायन करतालो.

भाशा संशोधन केंद्राकडल्यान 'लोकनाट्यातील संगीत' ह्या विशयावेल्या संशोधनाखातीर तांका 'होमी भाभा शिश्यवृत्ती मेळिल्ली. तेन्ना ताणें केरळांतल्या कुडियाट्टम, मोहिनी आट्टम, कथकली, मांच, नवटंकी, महाराष्ट्रांतलो दशावतार आनी हेर लोकनाट्य संगिताचो अभ्यास केलो.

जितेंद्र अभिषेकी, मुंबयक आशिल्लो तेन्ना मुंबय आकाशवाणीचेर कोंकणी विभागांत नोकरी करतालो. तशेंच १९७२ ह्या वर्सा लोणावळा हांगा ताणें गुरुकूल पद्धतीन संगिताचे शिक्षण दिवपाक सुरवात केले. ८-१० वर्सा मेरेन हो प्रयोग सुरू आशिल्लो. आनी कांय अर्थीक कारणाक लागून तो बंद पडलो. १९८७ ह्या वर्सा पुण्याक तो स्थायीक जाल्यान ताणें कांय शिश्यांक गुरुकूल पद्धतीन संगीत शिक्षण दिलें. ते भायर ताणें 'तरंगिणी प्रतिष्ठान' नांवान एक विश्वस्त न्यास स्थापन करपाक फुडाकार घेतलो. हुशार विद्यार्थ्यांक शिश्यवृत्ती, जेश्ट कलावंताक आदार दिवपाचो उद्देश ह्या न्यासान दवरलो. 'तरंगिणी प्रतिष्ठानाचे' वतीन दर वर्सा संगीत संमेलन आयोजीत जाता.

मराठी संगीत रंगमाचयेच्या पडट्या काळांत ताणें केल्लो वावर मोलाचो आसा. प्रा. वसंत कानेटकारांच्या संगीत 'मत्स्यगंधा' (१९६८) नाटकाची पुराय संगिताची बाजू पं. अभिषेकीन सांबाळिल्ली. आनी 'मत्स्यगंधा' ह्या नाटकान संगीत दिग्दर्शकाचो तांचो प्रवास सुरू जाल्लो. तशेंच 'ययाती देवयानी' (१९६७), 'कट्यार काळजात घुसली', 'मीरा मधुरा', 'गोरा कुंभार', 'हे बंध रेशमाचे' (१९७०), 'धाडिला राम तिने का वनी', 'कधीतरीं कोठेतरी', 'वासवदत्ता', 'महानंदा', 'लेकुरें उदंड जाहलीं,' अश्या कितल्याश्याच नाटकांच्या पदांक ताणें सुंदरश्यो चाली लायल्यो. पदांतल्या उतरांचे ताचे उच्चार स्पश्ट आसतात. कुसुमाग्रजाची 'सर्वात्मका सर्वेश्वरा' ही प्रार्थना ताचे गायनकलेचें एक आगळेंच खाशेलेंपण दाखोवन दिता.

'लोकनाट्यातील संगीत' ह्या विशयावेल्या संशोधनाखातीर ताणें भारतांतल्या कितल्याश्याच जाग्यांनी प्रवास केलो. तशेंच आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाभाशेनूच तांचे विदेशांतूय कार्यावळी जाताल्यो. ह्या कार्यावळींतल्यान तो वेग-वेगळे राग, भजनां, पदां सादर करतालो.

प्रभाकर कारेकार, राजा काळे, अजित कडकडे, विजय कोपरकार, सुधाकर देवळे, अरुण आपटे हे तांचे कांय वेंचीक शिश्य आसात.

पं. अभिषेकी हांका कितलेशेच मानसन्मान फावो जाल्ले. २६ जानेवारी १९८८ वर्सा भारत सरकारान तांका 'पद्मश्री' दिवन ताचो भोवमा केलो, तशेंच संगीत नाटक अकादमी पुरस्कार, स्वरसम्राज्ञी तला मंगेशकर पुरस्कार, महाराष्ट्र गौरव पुरस्कार, सूरश्री केसरबाई केरकर पुरस्कार, बालगंधर्व पुरस्कार, पुणे महानगर पालिका पुरस्कार अशे कितलेशेच पुरस्कार तांका फावो जाल्यात.

– स. मं.

अंबलमेड – कुलदेवता आनी देवळां

: केरळांतल्या कोच्ची वेंकटपतीचे देवळा सावन सुमार पंचवीस किलो मीटर पयस उदेंतेक तिन्पंतरे (तृप्पूणित्तुरा) म्हण एक गांव आसा. पोरण्या काळांत ह्या गांवांत कोच्ची रायाल्यो वसणुको आशिल्ल्यो. हांगासावन सुमार धा किलो मिटर पयस उत्तर दिकेक अंबलमेड गांव आसा. केरळ राज्य स्थापन जावचे पयलीं, अंबलमेड हो त्रावणकोर आनी कोची संस्थानचे शिमेवयलो गांव आसलो.

गोंय सांडून केरळांत येवन राविल्ल्यो गौड सारस्वत ब्राह्मणाल्या कुलदेवतांच्यो देवळां हांगा आसात.

गोंय सांडून कोच्ची येवन रावच्या काळा सावन आज मेरेन अंबलमेड प्रतिश्ठापना केल्लीं सातय देवळां आनी हाचे भायर नरसिंहाचें एक देवूळ कोच्ची आसात. कोच्ची नासलें एकच देवूळ आसा आनी तें कुलदेवता गणपतीचें देवूळ. तशेंच अंबलमेड नासलें कुलदेवताचें एक देवूळ कोच्ची आसा. तें नरसिंह देवाचें.

१) अंबलमेड कुलदेवतांच्या देवळांत पावल्यार पयलींच महागणपतीचें देवळ दिश्टींत येता. हांगा चार हात आशिल्ली गणपतीची शिळेची एक मूर्त प्रतिश्ठा केल्या. ह्या देवळाचे कुळावींचे गोत्र कौण्डण्य आनी काश्यप तर आडनांवां प्रभु आनी कामत आसा.

२) दुसरें देवूळ महामायेचें. श्री लक्ष्मीनारायण महामाया, शान्तदुर्गा, विजयदुर्गा, नवदुर्गा, आर्यदुर्गा आनी कात्यायिनी इत्यादी संकल्पार महामायेची पुजा जाता. हांगा मुर्तीक चार हात आसात. एक हातांत त्रिशूल आनी एक हातांत गदा आसात. आनी काश्यप गोत्राचे कंशी, कौण्डण्य, भारद्वाज आनी शणै, प्रभु कामत, शणै – भट, आनी कामत आडनांवाचे ह्या देवळाचें कुळावी आसात.

कोच्ची महामायेचें (कात्यायिनी) कुलदेवतेचें एक देवूळ ाशिल्लें. आज तिका पोरण्या महादेवा देवळांत बसयल्या. तिचे कुळावी म्हादेवाच्या देवळांत येवन आराधना करतात.

३) तिसरें देवूळ दामोदराचें. दामोदर म्हळ्यार विष्णु, दामोदराक दोन हात उजव्या हातान अनुग्रह करता आनी दोवा हात आपले दावे जांगेर दवरून आसा. ही मूर्त शिळेची आस्रा कुळाव्यांची गोत्रां आनी आडनांवां अशीं आसात. कंशी – कामत आनी प्रभु, गौतम – भट आनी प्रभु, भारद्वाज – शणै आनी भट, काश्यप – बाळिगा, हेगडे, पै आनी मल्ल्या.

'सास्टी' म्हण कोची गौड सारस्वत ब्रह्मणाची एक केरी आसा. ते केरींत दामोदराचें एक देवूळ आसा. रुक्मिणी आनी सत्यभामा सहित कृश्ण कुलावींची राखण करता असो लोकांचो भावार्थ आसा.

४) कुलदेवतेचें चवथें देवूळ नागेशाचें. नागेश, बाणेश्वर म्हण हाचें नांव. महादेवाच्या लिंगाच्या रुपान हांगा एक शिळा प्रतिश्ठित आसा. कुळाव्यांचों गोत्रां आनी आडनांवां अशीं आसात. कंशी – नायक, वत्स – मल्ल्या, कामत, भारद्वाज – प्रभु.

नागेशाचें देवूळ कोच्ची लोकां मदीं नागेश – महालक्ष्मी देवूळ म्हणून नांवान वळखतात. दोनूय हातांत नागाक धरून देवतेची मूर्त हांगा पळोवपाक मेळटा.

५) पांचवी कुलदेवता श्री रामनाथ सांतेरी कामाक्षीची. रामनाथ म्हण म्हादेवाच्या लिंगाची प्रतिश्ठा केल्या. कुलावी : कंशी – किणी, वत्स – बाळिगा, शणै, भट आनी किणी, कौण्डण्य – भट, शणै, पै, नायक आनी कामत, भारद्वाज – कामत.

श्री रामनाथ सांतेरीचें कुलदेवताचें देवूळ कोच्ची आसात. रामनाथ म्हण महादेव. हांगा सांतेरी आनी

कामाक्षी दोगांकूय पुजा लायतात. हाचे भायर पंचलोहनिर्मत एक मुर्तीक, एक बडयेर एक तोंड, ह्या रुपान हांगा पुजा लायतात. हाका काळभैरव वा बेताळ म्हण पाचारता.

६) सवें कुलदेवताचें देवूळ महालसा नारायणीचें. महालसा नारायणी विश्णूची बायल - शिळेच्या मुर्तीक़ चार हात, शंख, चक्र, गदा आनी पद्म चार हातांत आसा. कुलावी : कंशी - पै. भक्ता, मल्ल्या आनी भट, अत्री - पै, नायक, भट, मल्ल्या आनी शणै, गार्गी - कामत, भट आनी शणै, गौतम - प्रभु, भारद्वाज - पै, किणी आनी मल्ल्या.

महालसा नारायणी देवूळ कोच्ची आसा. पंचलोहाचे मुर्तीक चार हात. शंख, चक्र सहित एका हातांत एक असुराची तकली लेगीत धरलेली आसा. महालसा नारायणी उग्र रुपान दिशटींत येता.

७) सातवी शिळेचेर कोरांतणी केल्ली लक्ष्मीची शिळेची मूर्त. हे मुर्तीक चार हात. कुलावी : कंशी - कामत, गौतम - प्रभु, भारद्वाज - शणै, काश्यप - बाळिगा, हेगडे, पै आनी मल्ल्या.

कोच्ची कुलदेवता श्री महालक्ष्मी देवूळ आसा. पंचलोहान केल्ले मुर्तीक चार हात आसात.

८) आठवें देवूळ कृश्ण शैलनाथाचें. हाका देवकीनन्दन कृश्ण अशेंय म्हणतात. रवळनाथ म्हणूनय वळखतात. ल्हान कृश्ण, हातांत मुरली आसल्यान वेणुगोपाल म्हणूनय पुजा लायतात. अंबलमेड हांगाची प्रतिश्ठा देवकीचे मांडीर बसल्या कृश्णाची शिळेची मूर्त आसा. कुळावी : अत्री - प्रभु, वत्स - कामत, काश्यप - भट, प्रभु, नायक, पै आनी मल्ल्या.

कोच्ची वेणुगोपाल कृश्णाचें एक देवूळ आसा. कृश्णाच्या हातांत एक बांसरी आसा.

नरसिंह कुलदेव आशिल्ल्या कुळावींचें देवूळ अंबलमेड हांगा ना. हे लोक कोच्ची येवन तांची स्रद्धा आनी भक्ती नरसिंह देवाक अर्पण करतात. कुलावी : गौतम - मल्ल्या, प्रभु, कंशी - नायक, पडियार, प्रभु, शणै आनी भट.

अंबलमेड कुलदेवताच्या देवळांत त्रिकालपूजा आसता. महाशिवरात्रीक, शिवाची आनी शक्तीची पुजा लायतात. विश्णुच्या विशेश दिसा विश्णुची आनी लक्ष्मीची पुजा आसता. जन्माष्टमीक कृश्णाची आनी नवरात्रीक देवी, लक्ष्मी आनी सरस्वतिची पुजा लायतात.

गोंय सांडून कोच्ची वसाहत केल्ले सावन आज मेरेन गणपतीक सोडून बाकी सगळीं दैवतां कोच्ची आसलीं. गौड सारस्वत लोक आपल्या कुलदेवतेची आराधना करपा खातीर कोच्ची येताले. गोंयां उपरांत कोच्ची गौड सारस्वत ब्राह्मणांचें मुख्य केंद्र आशिल्लें. हे कुलदेवताची देवळां पळयतकीर प्रमाणीत जाता. काशीमठाच्या प्रशासना खाला हांगा एक वृद्धाश्रम आनी बालकाश्रम चलता.

ह्या देवळांची रचणूक गोंयच्या पद्दतीची आसली, तरी तातूंत गोथीक तशें जैन वासुतकलेचोय आस्पाव जाल्लो दिसता. श्री चेन्नास नारायणन नंबुद्रीपाद आनी श्री. ए. आर. एस. वडियार ह्या वासुतकलेच्या तज्ञांनी ह्या देवळांच्या प्रकल्पाची रचणूक आंखिल्ली. देवळांक सोब सारकें आनी देवांचे पुजेक लागपी पानांफुलां दिवपी झाडां आशिल्लें तपोवन (बाग) हांगां आसा. गोंयच्या देवळांक आसता तशे घुमूट, सरवळ्यो, द्वारपाल सारख्यो रचणुकोय हांगा दिश्टी पडटा.

गौड सारस्वत ब्राम्हणांनी गोंया सावन येताना हाडिल्ले तांचे कुलदेव एका प्रभागांत उरचे म्हणून,

श्रीमत सुधीन्द्र तीर्थ स्वामीन त्या देवांचीं देवळां हे सुवातेर बांदपाचो हावेस उक्तो केलो. काशी मठाक लागीं अशीं आशिल्ली आनी गौ. सा. ब्राम्हणांनी चलयल्ल्या बालकाश्रम आनी वृद्धाश्रमाकुशीक अशी ही इकरा एकर सुवात निवडून हांगा देवळांची उभारणी केली. देवळांचो बांदावळ जून १९८९ त सुरू जावंन, फेब्रुवारी १९९४ त तांची प्रतिशठापना श्रीमत सुधीन्द्र तीर्थ स्वामीजिंच्या मार्गदर्शनाखाला जाली.

– बी. लक्ष्मण मल्ल्या

अमृत–वाल : (मराठी : अमृतवेल, कन्नड – अमृतबळ्ळि, संस्कृत – अमृतवल्लि, इंग्रजी – Moon creeper, शास्त्रीय नांव – Timospora Cordibolia, कूळ – Menis permaceae).

हे वालिचो उपेग अमृतासमान आसता अशें धरिल्ल्यान हिका अमृतवेल अशें नांव पडलां. ही वेल माटवार वा रुखार वाडटा. हाची माटवार खास लागवड करता तशी ती आपशींच रानांतल्या रुखांचेर वाडटा. रानांतले अमृतवेलिचीं पानां व्हडलीं आसता. हें आयुर्वेदीक उपचारांत हे वालीक व्हड म्हत्व आसा. हिचेपासून केल्लें वखद ल्हान भुरग्यांक शक्तीवर्धक जाता. रगत शुद्धी, अस्थमा, अतिसार, डायबिटीस, कालीचे रोग असल्या पिडांचेर ही वेल उपकाराक पडटा. गोरवांक पुश्ट करूंक आनी तांणी चड दूद दिवंचें म्हणून हे वालिचे कांड गोरवांक खावयता. वखदी उपाय हे जाणकाराचे देखरेखेखाला करप गरजेचें आसा.

– सं. मं.

अमेम्बल, दिनकरराव (१९०९–१९९०) : एक कोंकणी संगितकार. मंगळुरच्या गणपती हायस्कुलांत मॅट्रीक मेरेनचें शिक्षण घेवंन ताणें फुडल्या पदवी मेरेनचें (बी. एस. सी.) शिक्षण पुण्याच्या फर्ग्युसन कॉलेजींत घेतलें. गायन आनी वादन (पेटी, मुरली) ही ताची आवड आशिल्ल्यान ह्या दोनय मळाचेर ताणें आपली बरीच तयारी केल्ल्यान तो एक संगितकार म्हणून लोकप्रिय जाल्लो. नामनेचे गायक मास्टर कृष्णराव हांची गायकेची शैली आपणायल्ल्यान रसीक ताका अपुर्बायेन दुसरो



मास्टर कृष्णराव म्हणटाले. १९२७ त तो 'इंडियन ब्रॉडकास्टींग कंपनीं' हे खाजगी वितरण संस्थेंत काम करूंक लागलो. १९३७ त सरकारान भारतीय संगिताखातीर कार्यक्रम अधिकारी म्हणून ताची ऑल इंडिया रेडिओत नेमणूक केली. त्यावेळार रेडिओ केंद्राचेर आपली कला सादर करपाक नावाजते कलाकार खोशी नासताले. तांकां रेडिओ केंद्रार हाडून रेडिओ खातीर तांच्यो संगिताच्यो कार्यावळी सादर करपाक तांका अमेम्बल दिनकररावान तयार

केले. दिनकररावाचें व्यक्तीमत्त्व, ताची ह्या मळावयली जाणकारी हांका लागून हरशीं रेडिओ केंद्रार योवपाक अनमनपी. व्हड संगितकारांनी आपल्यो कार्यावळी सादर केल्यो. तशेंच उप्रांतच्या काळांत व्हड नांव केल्ल्या जायत्या संगितकारांक तांच्या उमेदवारिच्या काळांत तांका रेडिओचेर संद दिवपाक दिनकररावा हाणें फुडाकार घेतला.

१९३५ त तयार केल्लो 'व्ही. यू. बी भारतीय वाद्यवृंद' (ऑर्केस्ट्र) आनी उप्रांत 'बंबई आकाशवाणी वाद्यवृंद' नांवान मुखार आयिल्ली मुंबय रेडियो केंद्राची निर्मिती ही दिनकरराव हांची 'दे मेल' ह्या टोपण नांवान केल्ली खाशेली निर्मिती आसली. नव्या वर्साचे आदले दिसा म्हणजे ३१ डिसेंबर १९३६ दिसा ह्या वाद्यवृंदाची वितरणी न्यूयॉर्काच्या नॅशनल ब्रॉडकास्टींग कंपनीन आपल्या केंद्रावयल्यान केल्ली. तशेंच ह्या वाद्य वृंदावरवीं वेगवेगळ्या रागदारींचेर आधारीत सुमार ५०० कार्यावळी सादर करून मनोरंजनावांगडाच नवोदितांखातीर वेगवेगळ्या रागांचें गिन्यान दिवपाचें काम केलें. ताच्या ह्या असादारण कामाखातीर ताका तेन्नाचे संगीत तज्ञ आनी आकाशवाणीचे महासंचालक श्री. व्ही. के. नारायण मेनन हाणें ताका भारतीय beethoven म्हणून गौरव केल्लो.

'सप्ताह – गीत' हे गीत मालिकेखाला ताणें लोकप्रिय मराठी तशें गुजराथी गीतकारांच्या गितांचेर आधारीत केल्ली कार्यावळ, श्री. बा. सि. मर्ढेकर ह्या मराठी कवीन बरयल्ले कार्यावळीचें सादरीकरण (१९४४–४७) आनी श्री. वॉल्टर कफमॅन हाच्या सांगातान केल्ली भारतीय शास्त्रीय संगीत आनी पश्चिमी संगीत फ्युजन–निर्मिती ह्यो ताच्यो खाशेल्यो कार्यावळी आसल्यो.

जेन्ना आकाशवाणिचेर पेटी वाद्याक बंदी आयली तेन्ना ताणे खाशेली अशी धातुची, उबे पद्दतिची मुरली आनी व्हायोलीन ही वाद्यां आपणायलीं. ताणें सुमार ५०० गाण्यांच्यो तशो वाद्यांच्यो चाली बसयल्यो. तशेंच खाजगी (बॉबी रेडिओ) रेडिओंत आसताना निर्माण केल्ली वाद्य–धून आजूनय रेडिओचेर वाजयतात. तो पालवी संचालक म्हणून निवृत्त जालो.

– अनंत अमेम्बल

अर्जुन : (संस्कृत : अर्जुन, गुजराती : अर्जुन सादरो, मराठी : अर्जुन सादडा, कन्नड : केंपुमेत्ती, हिंदी : अर्जुन, इंग्लीश : व्हाइट मुर्दा, लॅटीन : टर्मिनॅलिया अर्जुना रॉक्स्ब).

सुमार २४ मी. उंचाय आनी ३–४ मी. मोटाय आशिल्लें हें झाड दोंगर वा न्हंयचेदेगेर जाता. ह्या झाडाची साल दाट, गुळगुळीत, पांचवी, धवी आनी मात्शी तांबडी आसता. तिचे पातळ कपचे येतात. ह्या झाडाची पानां १३–२०x४–६ सेंमी सादीं, चिवट आनी गुळगुळीत आसता. फुलां हळडुवीं फुलतात. हीं फुलां एप्रिल – मे म्हयन्यांत फुलतात. ह्या झाडाची फळां वातड, पिंगशीं, लांबगोल, पांच पाखांची आनी एकबिजी आसता. हीं फळां सोंपत्या पावसाळो वा शियाळ्यांत लागतात. अर्जुनाचे लाकूड भायल्यांतल्यान तांबडे – धवें तशेंच भितरल्यान पिंगशें आसता.

अर्जुनाचे झाड ० अंश ते ४७.५ अंश से. मेरेनच्या तापमानार हाची वाड जाता. तसोच ७५ ते ३० सें. मी. पावस उपकारता. भुसभुशीत, ओली, सुपीक जमिनिचेर ह्या झाडाची वाड जाता. ''पॉलिस्टिक्टस

ऑफिनिस नीस' ह्या चित्यापसून रोपांच्या नवे फुटीर धवी कूज पडटा. ''ट्रिओझा फ्लेचेरी मायनर क्रॉफोर्ड'' नांवाची कीड अर्जुनाच्या फळांक लागता. ही कीड एप्रिल ते डिसेंबर मेरेन ततयां घालतात. ''गोलास्मा गोनियारा फेल्डर'' आनी 'लिमँट्रिया माथुरा' ह्यो किड्यो पानां खातात. जाल्यार ''करानिस्टस अर्बोरिअस जॉर्डन,' 'लिक्टस आफ्रिकॅनस लेंस्ने' आनी ''सिनोक्झिलॉन अनाले लस्ने'' ह्यो किड्यो झाडाच्या लाकडांक पोकरून उडयतात.

हिंदू समाजांत अर्जुन झाडाच्यो खांद्यो धार्मीक कार्यांत वापरता.

अर्जुनाचो उपेग घराचें मदेर, बैल गाडो बांदावळ, ल्हान व्हडीं करप, शेतींचीं आयुदां, म्हाल भरपाच्यो काशी (खोके) आदीं सारक्या निर्मितीक ह्या झाडाच्या लाकडाचो उपेग जाता. कान उसळत जाल्यार ह्या झाडाच्या पानांचो रोस कानांत घालता. ओंकारी वा पोटदुखण्याचेरूय ह्या झाडाच्या पाल्याचो रोस दिता. सालीचो दीख चामडे कामावपाक आनी रंगोवपाक वापरतात. सूज येवन जाळपी त्रास हाचेरूय ह्या झाडाच्या पाल्याचो लेप तयार करून दुदाबरोबर घेतात. काळजाचें दुयेंस आसल्यार हाचे वखद गुणाक पडटा. अर्जुनाची साल काडून ती शिजोवन तिचो अर्क गोडेमुताच्या दुयेंसांआड उपेगाक येता. सालींतलें अर्जुनीन, लॅक्टोन, अर्जुनेटीन, बाष्पनशील तेल, टॅनीन, रंगद्रव्यां आदी उपेगी पदार्थ आसात. खंयचोय वैजकी उपचार करचे पयलीं संबंधीत जाणकाराची बुद्द घेवंनच उपचार करचो.

– सं. मं.

अरगत : पळयात : आळवातीण

अर्नाळा किल्लो : हो किल्लो महाराष्ट्रांतल्या कोंकण भागांत, अर्नाळा जुव्यांचेर बांदला. वैतारण न्हंयच्या तोंडार आशिल्लो हो जुंवो ब्रिटीश राजवटींत गायचो जुंवो (Cow's island) म्हणून वळखताले. गुजरातच्या सुलतान महमदान १५१६ त हो किल्लो बांदलो. १७३९ च्या स्वारींत मराठ्यांनी हो किल्लो जिखतगीर ताचें नुतनीकरण बाजीराव पेशव्यान केल्ल्याची नोंद हांगच्या फातर पट्यांत दिसता.



१७८१ त इस्ट इंडिया कंपनिच्या सैनिकांनी कर्नल गॉड्डार्ड हाच्या हाताखाला हो किल्लो काबीज केलो. पूण अटीप्रमाण पर्थून पेशव्यांच्या ताब्यांत दिलो. अखेरेक १८०३ त तो कंपनीकडेन आयलो. मिलिटरी डेपो आनी जहाज बांदणी खातीर ह्या किल्ल्याचो वापर जातालो.

सद्याक, वैतारण न्हंयच्या तोंडार बांदिल्ली किल्ल्याची तटबंदी सोडल्यार, किल्ल्यांचें चडशें बांदकाम नश्ट जालां. प्रवेशदारार दोन बुरुज आसात. तशें प्रवेशदारार वाग आनी हतयाचें चित्र आसा. किल्ल्यार आशिल्ल्या त्र्यंबकेश्वराचे देवळांत आनी दत्ताच्या देवळांत भावीक लोक आजय जमतात आनी धार्मीक विधी करतात. तशेंच शाह अली आनी हाजी अली ह्या दोन संताच्यो समाधी थंय आसात.

– सं. मं.

अरबी समुद्र : अरबी समुद्र हो हिंदी महासागराचो उत्तर अस्तंत वाठार. हो वाठार पुर्वेक भारत, पश्चिमेक अरेबीयन द्वीपकल्प, उत्तरेक पाकिस्तान आनी इराण देश तर दक्षिणेक सोमालीयाचे उत्तरपुर्व टोंक (केप) ग्वार्दाफुय, सोकोत्रा, भारताचें कन्याकुमारी आनी श्रीलंकेचो पश्चिमी किनारो हाचे भितर शिमीत आसा. अरबी समुद्राची चडांत चड रुंदी २४०० किलोमीटर, खोलाय ४६५२ मीटर आनी क्षेत्रफळ ३८६२००० चौरस किलोमीटर आसा. अरबी समुद्राचें पुर्वेपुरातन नांव 'मेरे येरीथ्रेयम', अरेबीक भाशेंतलें नांव 'बेहेर अल अरब' तर संस्कृत भाशेंतलें नांव 'सिंधु सागर'. भारतीय ह्या दर्याक वेदीक काळासावन 'सिंधु सागर' ह्या नांवान वळखतात. सिंधु न्हंय ज्या सागराक मेळटा तो सागर म्हूण 'सिंधु सागर.' हें नांव पडला.

विषुववृत्ताक समांतर आनी लागींचो प्रदेश आशिल्यान वातावरण उष्ण. दर ६ म्हयन्यानी वाऱ्याची दिशा उरफाटी जाल्यान ह्या वाठारान दक्षिण-पश्चिमी आनी उत्तरपुर्व मौसमी पावसाच्या वाऱ्याक लागून जून ते सप्टेंबर आनी अक्टोबर ते जानेवारी अश्या दोन मौसमांत पावस पडटा. दक्षिण-पश्चिम भुप्रदेशांतल्यान बाबेल-मंडेब हो उदकाचो पाट येडन खाडीक तांबड्या समुद्राक जोडटा आनी अरबी समुद्राक मेळटा, तर उत्तर अस्तंत वाठारांतल्यान ओमान खाडी पर्शियन खाडीक अरबी समुद्राक जोडटा. तांबड्या समुद्राच्या वाठारांत पावस खूप कमी आनी बाष्पीकरण चड जाल्ल्यान ह्या दर्याचें उदक उष्ण आनी अरबी दर्यापरस खार आसता. पर्शियन खाडीचें उदक ओमान खाडी आनी सिंधू न्हंयच्या उदकांत भरसल्यान ताची खारसाण मात्शी कमी जाता. अरबी दर्याच्या सरभोवतणच्या तटीय प्रदेशांतल्यान अरबी समुद्राक मेळपी सगळ्यांत व्हड न्हंय सिंधू, तशेंच ताचे फांटे सतलज, झेलम, चिनाब, रबी आनी बीयास पाकिस्तानी वाठारांतल्यान, तर भारताच्या किनारट्टीवेल्यान अरबी समुद्राक मेळपी नेत्रावती, शरावती, नर्मदा, तापी, माही आनी हेर न्हंयांचो आवाट ल्हान आशिल्ल्यान पावसासकट गोड्या उदकाचो प्रभाव अरबी समुद्राचेर कमी प्रमाणांत पडटा आनी उष्णतायेक लागून बाष्पीकरण चड जाल्यान दर्याच्या उदकाच्या खारसाणींत चड चढऊतार जायना. अरबी समुद्राच्या वेल्या थराचे तपमान पावशी मौसमाच्या उदरगतीच्या दृष्टीन खूप महत्वपूर्ण आसा. अरबी समुद्र आनी सरभोंवतणच्या वाठारांत सरासरी २५० ते ३०० सेंटिमीटर पावस पडटा.

क्रिस्तपूर्व काळाच्या लागींलागीं तीन हजार वर्सांपयलीं तारवांतल्यान जावपी व्यापारधंदो ह्या समुद्रांतल्यान जातालो. जुलीयस सीझराच्या कारकीर्दीत व्यापारधंद्याखातीर जायते भूंय आनी दर्या जोडपी मार्ग उत्तरेकडले ओबड-धोबड भूंय मार्ग चुकोवपाखातीर ह्या दर्याचेर निंबून आशिल्ले. पुर्वपुरातन काळांत दर्यामार्गांतल्यान व्यापार करपी तारवांनी अरबी समुद्रांतल्यान उदेंतीकडल्यान उदेंत आफ्रीका, भारत दक्षिणपूर्व आशिया आनी चीन ह्या देशांक जोडल्या. इतिहासीक घडणुकांप्रमाण धाव्यानी भोंवडेक वचपी तारवट्यानी मौसमी पावशी वाऱ्याच्या आधारान ह्या समुद्रांतल्यान पलतड मारल्या. अरबी समुद्र युरोपक आनी भारत हांच्यामदीं तारवावेल्यान जावपी व्यवसायाक मुखेल दर्यामार्ग. हो समुद्र सुयेज कानालांतल्यान तांबडो समुद्र आनी मेडीटेरेनीयन समुद्राक जोडटा.

जैविक संपत्तीचे नदरेन अरबी समुद्राच्या मुळावे उत्पादकतेचो पांवडो जगांतल्या चडांतचड उत्पादक

समुद्रांपैकी एक आसा आनी हाचें कारण ताचें भौतिक गुणधर्म. वाऱ्याच्या गतीचो वेग चड आशिल्यान आनी समान घनतेच्या उदकाची खोलाय (दाटी) जरी चड आसली तरी सकल्या पातळीवेले चड नत्र आनी फोस्फरस (खाद्य) आशिल्लें उदक वेल्या पातळीचेर म्हणजे एउफोटीक झोनांत पावता. (दर्याच्या ज्या खोलायेपर्यंत उजवाड पावता त्या थराक एउफोटीक झोन म्हणटात). ह्या खाद्याचो वापर करून प्राथमिक उत्पादकतेचे प्रमाण वाडता. ह्या उत्पादकतेचे जेन्ना सकल्या थराचेर विघटन जाता तेन्ना प्राणवायुचो वापर जाता. उत्पादकता अती जाल्यान उदकांत भरशिल्ल्या प्राणवायुचे प्रमाण खूप कमी वा नश्ट जाता. ही घडणूक १५० ते सरासरी १,५०० मिटरांच्या खोलायेचेर घडता आनी ताका लागून ह्या खोलायेच्या परिसराक ऑक्सीजन मिनिमम झोन अशें म्हणतात. हें अरबी समुद्राचें एक महत्वाचें खाशेलेंपण. प्राणवायू जाय तितल्या प्रमाणांत न मेळिल्ल्यान जायते फावट दर्यातलें नुस्तें मरपाच्यो घटना घडटात. प्राथमिक उत्पादकतेंत वनस्पतीप्लवंगाचे मुखेल वर्ग – डायेटमस, डीनोफ्लाजीलेट्स, नोक्टुलिका, फियोसीसटीस, ट्रायकोडेजमीयम आनी क्लेडोसीरा. माध्यमिक जैविक उत्पादकतेंत प्राणीप्लवंगाचे १० मुखेल वर्ग अरबी दर्यांत सांपडतात. कोपेपोडा, किटोनेट्स, डेकापोड्स. ॲम्फीपोड्स, ओस्ट्राकोड्स, एवफाझीसीया, ओस्ट्राकोड्स, नुस्त्यांची ताताया, नुस्त्यांचे लारव्हा, मेडुसे आनी मयासीडासीया. प्रत्येक वर्गांत जायत्यो जाती आनी प्रत्येक जातींत जायत्यो परी आसतात. देखीक ओस्ट्राकोडाचो तीस परी अरबी दर्यांत आसात. माध्यमिक जैविक उत्पादकतेची दाटाय वेगवेगळ्या जाग्यांनी भीन्न आसून रुतुमानाप्रमाणे ती बदलता.

अरबी दर्यांत बांगडे, तार्ले, सुंगटां आनी लेपो ह्यांचें उत्पादन खूप जाता. गुजरातच्या तटीय भागांत बोंबिलांचे उत्पादन जाता तर भारताच्या दक्षिणी – पश्चिम किनारपट्टीचेर विस्वण, रांवस, सालमन, पाप्लेट ह्या नुस्त्याचो जाती सांपडटात. कट्टें आशिल्या नुस्त्याचो जाती म्हणजे कुल्ली, कालूं, तिसऱ्यो आनी कोंगे ह्या नुस्त्याचे उत्पादन अरबी समुद्रांत जाता.

खनिज द्रव्यांत इल्मानायट आनी मेग्नेटायटांत संपन्न आशिल्ली रेंव मेयटा. फोश्फोरायट आनी मेंगनीज नोडुल्स तशेंच तेल आनी नैसर्गिक वायुचे सांठे आसात. अरबी दर्याच्या दक्षिणपूर्व किनाऱ्याचेर मोनाझायट, थोरीयम आनी रेर अर्थ धातुंचे सांठे आसात. इराण – मक्रान तटीय भागांत गॅस हायड्रेट्स आनी मीथेन गॅसाचे सांठे सांपडटात. अरबी दर्याच्या पश्चिम तटीय (बोम्बे हाय) वाठारांत तेल आनी नैसर्गिक वायुचे सांठे आसात. ह्या साठ्यांतल्यान भारत उत्पादन करता. मध्यपुर्व देशांतल्यानूय इंधनाची आयात-निर्यात आनी पूर्व आशियाई देशांक टेंकर बोटीनी इंधनाचो पुरवठो करपी अरबी समुद्र हो एक म्हत्वाचो दर्यामार्ग आसा. अरबी दर्याच्या किनारपट्टीवेले देश तांच्या नाविक दलाच्या युद्धनौकांच्या आधारान आपापल्या देशाच्या राखणेचे काम ह्या समुद्रांतल्यान करतात. अरबी समुद्रांत ८ अंश ते १२.३० अंश अक्शांश उत्तर आनी ७१ अंश ते ७४ अंश रेखांश (पुर्व) ह्या वाठारांत बेटांचो द्विपसमुह आसा ताका लक्षद्वीप म्हणटात. लक्षद्वीप हो भारताचो वाठार. ह्या बेटांभोवतणी कोरल रीफ आशिल्ल्यान तीं सोबीत दिसतात. ह्या द्विपसमुहांपैकी मिनिकोय, काल्पेनी, अन्द्रोथ, अगथी, कवराती, अमीनी, कदमात, किल्तान, चेतलात, बित्रा, बंगाराम आनी जीट्टी हीं बेटां मुखेल आसात. हीं

बेटां सोबीत, वनस्पती आनी जीव सृष्टीत संपन्न आशिल्यान पर्यटनाखातीर नांवाजलेलीं आसात. लक्षद्वीप बेटांची लोकसंख्या ६०५९५ (२००१ च्या चांचणी प्रमाण) इतली आसा. ११ मुखेल बेटांचेर लोकांचो राबितो आसा. ह्या बेटांचेर वचपाक आनी तांचेर राबितो करून आशिल्या लोकांक साधन सामुग्री आनी हेर जीनसांचो पुरवठो भारताच्या दक्षिण किनारपट्टीचेर आशिल्या कोची बंदरांतल्यान बोटीनी जाता. तशेंच पर्यटकांखातीरूय कोची बंदरांतल्यान बोटींची येरादारी लक्षद्वीप बेटांचेर चालू आसता.

अरबी समुद्रांत व्यापारीच आयात निर्यात करपी मुखेल बंदराः मुंबय, मार्मागोवा (मुरगांव), कालिकट, कोची, कराची आनी एडन. दर्याचेर विज्ञानिक दृष्ट्या संशोधन करपी प्रयोगशाळा अरबी समुद्राच्या किनारपट्टीवेल्या कांय देशानी आसा. सरभोंवतणच्या देशांतल्या विद्यापिठांतल्यानूय अरबी समुद्राचेर संशोधन चलता. राश्ट्रीय समुद्र विज्ञान संस्थान (एनआयओ) हें एक उच्च दर्जाचें आंतरराष्ट्रीय नामना आशिल्लें संस्थान भारताच्या गोंय राज्यांत आसा. ह्या संस्थानांत दर्याच्या भौतिक, रसायनीक, जैविक, भूविज्ञान, तांत्रिक आनी जायत्या हेर विशयाचेर संशोधन चलता. भारताच्या ह्या संस्थानातल्यान आनी अरबी समुद्राच्या किनारपट्टीवेल्या देशांतल्या समुद्र संशोधन प्रयोगशाळांतल्यान अरबी समुद्राचेर संशोधनात्मक खूप मोहीमो जाल्यो. युरोप आनी अमेरीका खंडांतल्या देशांतल्या समुद्रसंशोधन प्रयोगशाळांतल्यान तशेंच विद्यापिठांतल्यानूय ह्या समुद्राचेर संशोधन चलता. समुद्राच्या मोहिमांतल्या अभ्यासांतल्यान काडिल्ले निश्कर्श संशोधनात्मक निबंध जायत्या देशी आनी परदेशी नेमाळ्यांतल्यान उजवाडावपांत आयल्या. नुस्तेंमारीचेर सर्वेक्षण करपी फिशरीस सर्वे ऑफ इंडीया ही संस्था भारताच्या दिल्ली राज्यांत आसा. नुस्तेंमारीचेर संशोधन करपी सेंट्रल मारायन फिशरीस रीसर्च इंस्टीट्यूट भारताच्या केरळ राज्याच्या कोचीन वाठारांत आसा. नुस्तेमारी संबंधी माहीती ह्या संस्थानांतल्यान मेळटा आनी नेमाळ्यांतल्यानूय उजवाडावपांत येता.

– डॉ. (श्रीमती) सुगंधा दिलीप सरदेसाय

अरवली घाट : पळयात : पश्चमी घाट

अरेबियन सी : पळयात : अरबी समुद्र

अर्सुलायन फ्रान्सीस्कन भयणांमेळ : फ्रान्सीस्कन मार्द्रिची लोकसेवी आंतरराष्ट्रीय संस्था. ही संस्था कर्नाटकांतल्या मंगळुरच्या बंदर वाठारांत १८८७ त घडली. ती घडोवपाची कल्पना आनी प्रत्यक्षात हाडपाची हिकमत, ते वेळावयलो मंगळुरच्या रोजारियु कॅथेड्रलचो पयलो निवासी पॅरीश पाद्री फा. उर्बान स्टेन ह्या जलमान जर्मन आशिल्ल्या जे जुईत पाद्रीन दाखयली. त्या काळांत बंदर वाठारांतल्या गरीब, भुरग्यांक, बायलांक आनी हेर पिडेस्तांक शिक्षण, भलायकी तशें हेर सेवा दिवपाच्या उद्देशान ताणे हे संस्थेची स्थापना केली. 'अर्सुलायन' हें उतर सेवाभावी संतीण आनी हुतात्मो जाल्ली जर्मनिची संतीण 'अर्सुला' हिच्या नांवा वयल्यान घेतलां. सुर्वेक हो मेळ फा उर्बान स्टेन हाच्या मार्गदर्शनाखाला आनी बंदर वाठारांतली गरिबांतल्या गरिबांच्या आनी दुबळ्यांच्या कल्याणाखातीर मंगळुरापुरतो वावर करूंक लागलो. ह्या वावरांखातीर फा. स्टेन हाणें त्या



संस्थेचें बोधचिन्न

अर्सुला भयण

वाठारांतल्या सेवाभावी बायलांचो आदार घेतलो.

२१ ऑक्टोबर १८८८ त फा. उर्बान स्टेन हाका मरण आयले उप्रांत मदर निम्फा फेर्नांडीस हिणें आपले हिकमतीन आनी घरच्यांच्या तशें सांगात्यांच्या पालवान ह्या मेळाचो वावर तितक्याच तांकीन मुखार व्हेलो. तिणें रोजारियु कॅथेड्रल फाटली जमीन संपादन करून थंय एक नळ्याचें घर बांदलें. हे संस्थेचो हो संस्थापक आलिसरो जालो आनी आजय तो जशाक तसो थंय उबो आसा. अशेतरेन स्वताचे वास्तूंत रावून संस्थेचें कार्य करपाची सुविधा जाल्ल्यान ह्या मेळांक एक अधीकृत मांडावळ प्राप्त जाली आनी मदर निम्फा ह्या मेळाची पयली 'सुपिरियर जनरल' जाली.

मदर निम्फा हिका २४ फेब्रुवारी १९०९ त मरण आयले उप्रांत म्हान जेजुईत धर्मनेमी फा. मॅक्री हाणे मंगळुरच्या अर्सुलाम मेळाक एक धार्मीक मेळ म्हणून रोमच्या धर्म अधिकाराची १३ मे १९३४ दिसा मान्यताय घेतली. १९५५ ते ५८ मजगतीं फा. पॅसीफिक्स हाणें अर्सुलायन आनी फ्रान्सीकन आध्यात्मांत व्हड बदल घडोवन, तांच्या संविधानांत तेप्रमाण बदल घडोवन नव्यान तीं बरोवन काडली आनी तांकां धर्मपिठांची मान्यताय घेवन तांकां संलग्न करून घेतलीं. तेन्नाच्यान ह्या मेळाचें नांव अर्सुलायन फ्रान्सीस्कन मेळ म्हणून निश्चीत जालें. ह्या मेळाचें यशस्वी वाटचालींत जाय त्या व्यक्तिंचो हातभार लागून हे संस्थेचो विस्तार कर्नाटकाभायर भारतांत तसो विदेशांतय जाला. आयचे घडयेक ह्या मेळाचीं देशी विदेशी मेळून १०५ केंद्रां आसात आनी थंय ८५० परस चड माद्री लोक सेवेचें काम करता. ह्या मेळा सकयल शिक्षणीक संस्था, उद्योगीक कार्यशाळा, अनाथालयां, वसतीघरां, वृद्धाश्रम आनी हेर सेवार्थी उपक्रम चलता.

डिसेंबर २००१ त ह्या मेळाच्या, मंगळुरांतल्या संस्थापक घराचो शतक महोत्सव मनयलो. ह्या महोत्सवानिमतान, ह्या मेळाचो संस्थापक फा. स्टेन हाचे फोटू आशिल्लें पोस्ट – कार्ड, भारतीय पोस्ट

खात्यान प्रसिद्ध केल्लें. सद्याक हें संस्थेंची २०१६ कार्यकाळाखातीर रेव्ह. सिस्टर डोरीन डिसौझा हिची निवड जाल्या. हाचे पयलिंच्या २००४-२०१० काळांतच ती ह्या पदार आसली

– व्हिक्टर डिसिल्वा

– सं. मं.

अलिबाग : कुलबा जिल्ल्याचे आनी अलिबाग तालुक्याचे मुखेल थळ. हे मुंबयच्या दक्षिणेक ३१ कि. मी. चेर आसून भारताच्या पश्चिम दर्यादिगेचेर साखर खाडिच्या तोंडाकडेन हें बंदर आसा. अलिबागचे क्षेत्रफळ १.१ चौ. कि. मी. आसून १८६४ वर्सा हांगा नगरपालिकेची थापणूक जाली. हांगा दोन तांत्रीक शाळो, एक महाविद्यालय आनी खुबशो माध्यमीक शाळो आसात. दोन मराठी साताळीं आनी एक मासीक हांगाच्यान प्रसिद्ध जातात. हांगा एक भूभौतिकीय वेधशाळा १९०४ पसून कार्य करत आयिल्ल्यान तिका आंतरराष्ट्रीय महत्व आसा.

तांदूळ, भाजीपालो, नुस्तें, कलमी आंबे, सुपारी आदी म्हाल हांगाच्यान रेवसमार्ग हांगा व्हड्यान आनी धरमतर – पेण – पनवेल मार्ग हांगा मोटारीन



अलिबागचीं कांय म्हत्वाचीं थळां

मुंबयत धाडून दितात. सुमार तिनशें वर्सां आदीं अली नांवाच्या एका मुस्लीम दादले मनशान बऱ्योच बांयो खणून आंबे आनी सुपारी बागांनी रोयले अशें म्हणटात आनी हाचेवयल्यान 'अलिबाग' हें नांव पडलें. सरदार कान्होजी आंग्र्यांचो 'हिराकोट' तशेंच हेर वाड्यांचे अवशेश अजुनूय गांवांत आसात. शाराच्या दोनशे मी. अंतराचेर एका ल्हानशा जुंव्यार कुलाब्याचो किल्लो आसा. थंय मायनाक भंडारी ह्या शिवाजिच्या आंग्र्यांनीय आपले मुखेल ठाणे हांगाच दवरिल्ले. हे किल्ल्यांत भवानी, गणपती, मारुती, वेताळ आदी देवळां आसून चैत्री पौर्णिमेक हांगा जात्रा भरता.

– सं. मं.



तोक्याभार बांदोडें

अवसर (भार, दर्शन) : खंयच्याय दैवताचो मनशाच्या आंगांत संचार जावंन, त्या दैवताची अलौकीक सासाय त्या मनशाचे कुडींत रिगता आनी तो मनीस देवसदृश्य जाता असो भावार्थ आसा. मनशाचे अशे देवसदृश्य अवस्थेक अवसर अवस्था म्हणटात.

अवसर हें उतर अव+सर अशां उतरांतल्यान घडलां. 'अवं' म्हटल्यार 'सकयल' आनी 'सर' म्हटल्यार 'सरप'. देव आपल्या स्थानावयल्यान सकयल देंवून भक्ताच्या आंगांत रिगता, अशा अर्थाचें हें उतर आसा. अवसर ह्या उतराक भार, दर्शन, आंगांत योवप हीं पर्यायी उतरां आसात. अवसर आयलो म्हणटकीर ती व्यक्ती सदचे परस वेगळी आनी आवेशपूर्ण वागता. तिचें हालचालिची तशी उलोवपाची क्षमता वाडटा. ह्या बदलांक लागून तिचेर 'भार' (आवेश) आयला अशें म्हणटात. अवसर हो खंयच्या ना खंयच्या दैवताच्या नांवांन येता आसल्यान तें दैवत अवसाराच्या रुपान भक्तांक दर्शन दिता अशें समजप जाता. अवसर येतकर ते व्यक्तिच्या आंगांत एक दैवी शक्त येता अशें धरिल्ल्यान ताका आंगांत योवप अशेंय म्हणटात.

अवसर केन्नाय अचकीत येता आसलो तरी, दसरो, होळी, धुळवड, जात्रा अशा वर्सावळिच्या कार्यांनी अवसर थारावन हाडटात. तशेंच कसल्याय आकांताच्या प्रसंगार संकश्टाचें निवारण जावंचें ह्या उद्देशान, मुद्दाम अवसर हाडपाची क्रिया घडटा. तेखातीर जांचेर अवसर हाडपाचो आसा तांकां देवळाच्या सभाघरांत वा मांडार – माटवांत उबे करतात. देवाचो कौल घेवन, देवळांतलो पुजारी वा गांवचे जाणटे, त्या त्या देवाच्या नांवान, ताणीं भाराच्या रुपान प्रकट जावंचें म्हण होरायता. ही

होरावणी करताना, भार योवपी मनशांचेर 'हर हर म्हादेव' वा तत्सम उतरांनी मंत्रिल्ले तांदूळ मारतात. हाका शेंस मारप म्हणटात. ती मारतांना धोल बडोवन, घांटी मारप आनी देवाचो गजर घालप व्हडा आवाजान करतात. सुर्वेक भार योवपी मनशाचें आंग शिरशिरता. उप्रांत ताची पुराय कूड कडकडटा तो मोठ्यान उस्वास घेवन उलयता आनी भार येवप तेंगशेर पावलें म्हणटकीर ताका ताचीच कूड सांबाळूंक येना जावन तो झटक करून जमनीर घालून घेता. उप्रांत हेर लोक ताका सावशीत करून सरळ उबो करता. मागीर तो ल्हवल्हव करून थंड जाता. कांय भार, गर्देतल्यान नेटान वाट काडून ताचेर भार आयिल्ल्या दैवताचे सुवातेर वचून थंयचो आशिर्वाद घेतले उप्रांत थंड जाता. थंड जाल्ले अवस्थेंत मागीर, भार आयिल्लो मनीस, आपल्या आंगांत संचारिल्ल्या दैवताचे वतीन भक्तांच्या कपलाक, हातार बिबूत (पवित्र गोबोर) दिवन आशिर्वाद दिता. भक्तांनी केल्ल्या गाराण्यांचेर उपाय सुचयता.

आंगार अवसर आयिल्ल्या मनशाच्या कुडिची असादारण क्षमता दिसता. अवसर येवचे पयलीं सादारण क्षमतेचो मनीस अवसर येतकीर अचाट बळग्याची क्षमता दाखयता. भार आयिल्ल्या मनशाक आवरपाक चार-पांच मनशांक नाकापुरो जाता. गोंयांत, जांबावलेच्या दामोदर देवस्थानांत, नवरात्रां उप्रांतचे पुनवेक काडिल्लोभार (मनीस) कायलींत तापयल्ल्या सळसळपी तेलांतल्यान हात घालून वडे भायर काडटा. तशें करताना ताच्या हाताक कसलीच बाधा जायना. तेचप्रमाण, अंकोला (कर्नाटक) शारांतल्या भांगरा महामायेच्या देवळांतलो भार, आनी कुमठा, माविनकुर्वेच्या देवळांनीय अशेच तापिल्ल्या तेलांतले निखट्यां हातांनीं वडे काडपी भार आसात. गोंयांत म्हार्दोळ, पिरवळ, रामनाथी देवस्थानांनीं होमखणांतले पेट्टे इंगळे हातांनी काडून घेवपी भार आसात. शिरगांवचे लईरायीच्या देवस्थानांत दर वर्सा जावपी होमखणांतल्या उज्यांतल्यान उक्त्या पायांनी चलून वचपी धोंड (अवसर आयिल्लो) आसात. तांकां थंयच्या इंगळ्याची कसली बाधा जायना. सगळ्यांच अवसरांखातीर एक पथ्य आसता. ताणें अवसराच्या काळांत व्रतस्थ रावचें लागता.

अवसर हो कोणाचेरय येना. तो चडसो वंशपरंपरेन थारावीक घराब्यांतल्या जाण्ट्या मनशाचेरच येता. त्या घराब्यांतलो जाण्टो मनीस मेले उप्रांत ताच्या वंशजाचेर आपोआप अवसर येता वा तो संबंधीत दैवताच्या कौल - प्रसादावरवीं थारावन हाडचो लागता. चडशे भार हे देवांचे आशिल्ल्यान भार येवपी व्यक्ती दादलेमनीस आसप सभावीक आसा. पूण कांय कडेन देवींचे भार येता आनी ते बायल - मनशेचेर येता. गांवगिऱ्या वाठारांनी देवस्थानां भायर, खाजगी स्वरुपांत आनी व्यक्तीगत थरार दादलो - बायलेचेर अवसर येता. गांवचे लोक प्रसंगानुसार अशा अवसरांमुखार वचून तांचेकडल्यान आपल्या प्रस्नांक जापो सोदतात आनी तांच्या सल्ल्यानुसार उपाय करता.

धालां - मांडार, धालां- राती सोंपल्याउप्रांत, दुसरे दीस सकाळच्या पाराक मांड दवरताना पिंगळी विधी जाता. हे विधींत 'रंभा' चो अवसर आंकवार चलयांचेर येता. हेर अवसरांसारकेंच 'रंभा' अवसरय लोकांक आशिर्वाद दितात. 'रंभा' अवसारावांगडाच आंकवार चलयांचेर 'खेतलों' चो अवसर येता.

विज्ञानीक नदरेन, अवसरा फाटल्यान कसलो शास्त्रीय आधार दिसलोना, तरी आयच्या आधुनीक काळांतय लोकांचो अवसराचेर भावार्थ आशिल्लो

दिसता. म्हणूनच अवसराची परंपरा आदले वरीच आयजय सगळेकडेन चलिल्ली दिसता.

– सं. मं.

अश्वगंध : शास्त्रीय नांव : विथानिया सोमनीफेरा. कुटूंब : सोलानासेय, इंग्लीश : विन्टर चॅरी, कन्नड अश्वगंध, संस्कृत : अश्वगंध. हें ल्हान आकाराचे गिमाळें झाड. हाच्या फळाचो रंग केसरी आसता. आयुर्वेदांत हाचें नांव 'अश्वगंधारिष्ठ' अशें आसा. हाच्यो बियो आनी मुळां वखदी आसता. हें शक्तिवर्दक आसून पांय फोडप, पांयांक सूज येवप आनी काळजाच्या अशक्तपणाचेर तें उपेगी पडटा.

– सं. मं.

अशिर्फी : आदल्या काळांतलें एक नाणें.

अशोक : (मराठी – लाल अशोक, हिंदी : अशोक, संस्कृत : अशोक, गुजराती : अशोक, कन्नड : अशुगे, इंग्लीश : अशोक ट्री, लॅटीन : सराका इंडिका).

बाराय म्हयने पानां आशिल्लो हो सुंदर रुख. ताची उंचाय सुमार ६–९ मी. आसता. साल गडद तपकिरी वा पिंगशी आसता. पानां पांखांभशेन एकसंघ, एकाफाटल्यान एक, तांचे खाचीन ल्हान पालवे पान आसता. कवळीं आसतना हीं पानां हुंबकळपी आनी तांबसार आसतात. दलां चकचकीत आनी ४–६ जोड्यांनीं येतात. डिसेंबर ते मे ह्या म्हयन्यांत पानांच्या खाचींत तांबडे तुरे येतात. ह्या तुऱ्यांक सुर्वेक

हळडुविशीं, उपरांत नारिंगी आनी मागीर तांबडी दिसपी फुलां येतात. फुलांचें देठ, छदां (bract) आनी छंदकां (bracteole) तांबडीं आसतात. फुलांच्या सकयल आशिल्लो संवर्तच (Calyx) पाकळ्यो कशो दिसता. केसरदळां ७–८ आनी तीं फुलां भायर बागवल्लीं आसतात. तातुंतलो परागकोश जांबळो आसता. ह्या रुखाक गडद तपकिरी, चेपट्यो आनी तोंकां आशिल्ल्यो सांगो येतात. तातूंत ४–८ चेपट्यो आनी लांब बियो आसतात. रावणान सीतेक लंकेंत व्हरतकच तिका अशोक वनांत दवरिल्ली, असो उल्लेख मेळटा.

नव्या रुखाची लागवड बियांपासून जाता.

कोंकण, गोंड, सह्याद्री आदी वाठारानीं हे रुख आसात.

ह्या रुखाक दुखाचो नाश करपी आनी कल्परुख मानतात. हिंदू धर्मांत हो रुख पवित्र मानिल्लो आसून तो कामदेवाक अर्पण केला. अशोक षष्ठीच्या दिसा बायलो ह्या रुखाच्यो कळ्यो खातात. ह्या रुखाची साल स्तंभक (आकुंचन जावपाक मदत करपी) आसता. गर्भाशयाच्या दुखण्याचेर दुदांत ही साल उकडून दिल्यार ती गुणकारी आनी पुश्टिक थारता.

फळां कुटून आनी उदकांत कालोवन रक्तातिसार, मूळव्याध आनी मोडशी (अमांश) हांचेर दितात. गोडेमूत ह्या दुर्येसांचेर सुकिल्लीं फुलां उपेगी पडटात. ह्या रुखाची पानांय वखदी आसात. वैजकी उपचार करताना जाणकाराचे सांगणेप्रमाण करपाची जतनाय घेवंची.

– सं. मं.

अष्टमठ : पळयात : उडुपी

अस्नोडकार, कृष्णाजी नारायण : (जल्म : १८७३, अस्नोडें – गोंय; मरण : ?)

गोंयचो मराठी कादंबरीकार. अस्नोडकाराच्या शिक्षणाविशीं पुराय खबर मेळना. कोंकणी वांगडाच मराठी, इंग्लीश, बंगाली आनी गुजराती भाशेचे ज्ञान ताका आसलें.

१८९१ वर्सा सावन अस्नोडकारान बरोवपाक सुरवात केली. १९०२ वर्सा ताणें देवी प्रसन्न रॉय चौधरी हाचें मूळ बंगाली कादंबरीचो अणकार करून १७० पानांची 'संन्याशी' ही कादंबरी बरयली. उपरांतच्या काळांत ताच्या बरपाविशीं खबर मेळना. पूण १९२१ ते १९३२ वर्साच्या काळांत ताणें सुमार ४० पुस्तकां बरयल्यात. तातूंत भक्ती आनी नीत, तशेंच अहिल्याबाई आनी मीराबाई हांची चरित्रां बरयल्या. हाचें भायर ताणें ५ संगीत नाटकां बरयल्यांत. तातुंतल्या 'अग्रहार' आनी 'हाच परिणाम' हाचें प्रयोग जाल्यात.

ताका बरी प्रसिद्धी मळ्ळी ती कादंबरीच्या मळार. अस्नोडकाराच्यो कादंबरी म्हळ्यार सामान्य वाचकाक आवडपी सामान्य अश्यो कथा. तशेंच बऱ्या पांवड्याच्यो आनी खळबळजनक, शृंगारकथाय ताणें बरयल्यात, तातुंतली 'विलासी कांता,' 'संन्याशी' ह्यो कादंबऱ्यो बरयल्यो.

ताणें महात्मा गांधी, नरसी मेहता ह्या गुजराती भाशेंतल्या, चरित्रांचे ताणें अणकार केल्यात. स्वामी विवेकानंदाच्या 'Devotion' ग्रंथावेल्यान 'भक्ती आनी मेरी कॉरेलीच्या लेखांवेल्यान ताणें 'नीतिसौंदर्य' ही पुस्तिका ताणें १८९१ वर्सा उजवाडाक हाडली.

तेन्नाच्या काळांत 'चार आणे माला,' 'तीन आणे माला,' आनी 'एक आणा माला' अश्यो कादंबऱ्यो म्हयन्या – म्हयन्याक उजवाडाक येताल्यो. तातुंतली 'तीन आणे माला' नरहर रामचंद्र जोशी नांवाचो मनीस चलयतालो आनी हे माळेंतलो अस्नोडकर एक मुखेल लेखक आसलो. रहस्य, शृंगार आनी म्होंवाळ कथानक आशिल्ली सुमार ७५ ते ८० पानांची पुस्तकां ह्या माळेंतल्यान उजवाडाक आयल्यात.

– सं. मं.

अळमें : (मराठी – अळंबी, कन्नड – अणबे, संस्कृत – उच्छिलीन्ध्र, हिंदी – कुकुरमुत्ता, इंग्रजी – मश्रूम, गुजराती – बिला, डिनोटोप, उर्दू – सॉपकी टोपी, बंगाली – बेंगर छाता).

अळमी म्हणजे बुरशी वा चित्याचो एक प्रकार. हेर वनस्पती प्रमाण अळमें आपले स्वताचें अन्न तयार करपाक शकना, कारण ताच्या आंगांत क्लोरोफील नावाचो घटक आसना. ते खातीर अळमीं कसल्यातरी सेंन्द्रीय पदार्थाचेर जगतात. अळम्याची गणना बुरशीच्या 'ॲस्कोमायसीट्स' आनी 'बॅसीडीयोमायसीट्स' ह्या प्रकारांत जाता.

धर्तरेचेर अळम्याच्यो एक लाखावयर जाती आसात. हातुंतल्यो सुमार हजार भर जाती खावपाखातीर वापरतात. अळम्याच्यो कांय जाती विखारी आसतात.

मनशाच्या जेवणांत पुरातन काळापासून अळम्यांचो उपेग जातालो, म्हणपाचे पुरावे मेळटात. इजीप्त देशांतले राजा आपल्या जेवणांत अळम्याचे वापर करताले, म्हणपाचो उल्लेख कांय बरपावळींत मेळटा. ग्रीक आनी रोमन लोक अळम्याक देवाचें अन्न मानताले.

अळमें साधारणपणान सत्रेसारखे दिसता. थोड्या अळम्यांक सत्रेभशेन दोळोय आसता. दांड्याचो कांय भाग (अळमा) जमिनी पोंदा उरता, आनी तो बरींच वर्सां जिवो उरता. फावो तशें वातावरण मेळटकच जमनिंतल्यान भायर सरता. तशें वातावरण नासल्यार अळम्याचें बीं (अळमो) मरता.

सैमीक लागवड : झाडांची उत्पत्ती जशी बियांपासून जाता तशीच अळम्याची उत्पती बियांपासून - स्पोर्स (Spores) पासून जाता. अळमी पुराय वाडल्याउपरांत ताचे तोपयेसकयल जें पातळ आवरण आसता तें फुट्टा, आनी तातुंतल्यान कितलीशींच अळम्याचीं बियां भायर पडटात. हातुंतली कांय बियां वाऱ्यान जळींमळीं पातळटात. कांय बियांचो प्रसार वायटी, मुयो हांचेवरवीं जाता, तर कांय बियां थंयच पडून उरतात. ह्यो बियां बरोच तेप सुप्तावस्थेंत उरता. फावो तशें तापमान आनी ओलसाण मेळटकच ताचेंपासून अळमीं किल्लून येतात. सैमीक रितीन ही सायकल चालूच आसता.

कुत्रीम लागवड : अळम्याच्यो खावपासारक्यो कितल्योश्योच जाती आसात, पूण ह्या सगळ्याच जातींचीं कृत्रीम पद्धतीन लागवड करप शक्य ना. भारतांत तशेंच जगांत वेपारी तत्वाचेर कांय अळम्याच्या जातींचीं लागवड करतात. त्यो जाती अश्यो आसात १) बटण अळमी (Agascus Bisporus) २) 'धिंगरी' अळमी (Plurotus Species) आनी ३) 'पॅडी स्ट्रो' (Volvelaria Species)

बटण अळम्याची लागवड युरोप, अमेरिका, तैवान, कोरिया ह्या देशांनीं मोठ्या प्रमाणांत करतात, 'पॅडी स्ट्रो' ह्या जातीची लागवड हाँगकाँग, थायलँड, फिलिपीन्स, इंडोनेशिया, मलेशिया ह्या देशांनीं व्हडां प्रमाणांत करतात. 'धिगंरी' अळम्यांची लागवड



इटली देशान मोठ्या प्रमाणांत आसा. भारतांत पॅडी स्ट्रो या जातीच्या आळम्याची लागवड कोईमतूर, कानपूर, म्हैसूर, बंगळूर, दिल्ली हांगा करतात. बटन अळमी उत्तर भारतात, हिमाचल प्रदेश, जम्मू काश्मीर हांगा मोठ्या प्रमाणांत जातात. भारतांत धिगंरी अळम्याची लागवड पंतनगर, म्हैसूर, कोइमतूर, ह्या भागांनीं करपाक सुरवात जाल्या.

'बटन अळम्यां'ची लागवडी खातीर वातानुकुलीत यंत्रणेची गरज आसता, कारण ह्या जातीच्या अळम्याचे लागवडीखातीर १६- ते २० डिग्री तापमानाची गरज आसता. गोंयच्या हवामानांत धिंगरी जातीची अळमी

वर्सांतल्यान बाराय म्हयने करपाक जाता. कारण हे जातीच्या अळम्यांक २० ते ३३ डिग्री तपमानाची गरज आसता. हे जातीची लागवड गोंयांत खूपकडेन करतात.

'धिंगरी अळम्या'ची कुत्रीम लागवड : हे जातीची लागवड, भाताचें वा गंवांचें तण, मक्याचीं कणसां, भाज्येंचीं पानां, हांचेर करतात. गोंयांत तशेच हेर किनारी वाठारांत भाता-तण सोपेंपणान तशेंच सवाय मेळिल्ल्या कारणान भाता-तणाचो वापर करतात. पयलीं भाता-तण २-३ दीस वताक सुकयतात, उपरांत ताचे ३-५ सें. मी. लांबायेचे कुडके करतात. हे कुडके १२-१६ वरां उदकांत बुडोवन दवरतात. उपरांत हे कुडके १५-२० मिनटां ८५ अंश से तापमानाच्या उदकांत बुडोवन काडटात, आनी मागीर २-३ वरां पातळावन दवरतात.

अळमी विकपी अळमेकान्न.

१५० गेज दाटायेच्यो, आनी ३५x५० सें. मी. आकाराच्यो प्लास्टीक पिशव्यो अळम्याच्या लागवडीखातीर वापरतात. पिशवी भाता-तणाच्या कुडक्यानी भरच्या पयलीं पिशवेच्या सकयलेवटेन दोन पुडांक बुराक मारतात. उपरांत, तीन थरांनी ही पिशवी भरतात. १० सेंमी भाता-कणाचो एक थर जातकच हातीशिरभर अळम्याच्यो बिंयो घालतात, परत दुसरो, तिसरो थर रचून जातकच पिशवी बांदून दवरतात. १५-१६ दिसांनी पिशवी धवींफूल्ल जाता. अशा वेळार पिशवी कातरतात. पिशवी कातरल्या उपरांत ७-८ दिसांनीं अळमी मेळटा. पयले फावट अळमी काडटकीर ७-८ दिसांच्या अंतरान दोन फावट अळमी येता. अशी अळमी काडल्याउरांत १२ वरांमेरेन ताजी उरता. फ्रिजांत दवरल्यार ३-४ दीस ताजी उरता. अशी अळमीं सुकोवन दवरता, कारण तीं ६ म्हयनेमेरेन वापरपाक मेळटा.

अळमी हें एक पुश्टीक अन्न आसा. अळम्यांनी स्निग्ध पदार्थ उण्या प्रमाणान आसता, जाल्यार प्रथिनां, जिवनसत्वां आनी क्षार मोठ्या प्रमाणान आसता. जपानांत जाल्ल्या संशोधनांत अशे दिसलां, की अळमीं नेमान खाल्यार, कर्करोग जावपाची शक्यता उणीं आसता.

व्हडल्या गोंयच्या कृषी विज्ञान केंद्राचेर धिंगरी अळम्याच्या लागवडीविशी प्रशिक्षण दिता. तशेंच अळम्याचें बीं गरजेवंतांक, 'एलाफार्म' हांगा आशिल्ल्या 'समेती' ह्या कार्यालयांत मेळटा. गोंय धरून अस्तम घाटांतल्या कोंकण वाठारांत रोयणीवयलीं निसर्गीक अळमीं जुलै ऑगस्ट ह्या म्हयन्यांनी मेळटा. हे जातीची अळमी 'टरमेटोमायसीस' गटाखाला

येता. वर्साक सुमार ५०-६० टन अळमीं मेळटात. ह्या अळम्यांची कुत्रीम पद्धतीन लागवड करप आजून शक्य जावंक ना. हीं अळमीं दिवचल, सत्तरी, सांगे, फोंडे, केपें, काणकोण ह्या भागांनीं चड प्रमाणांत मेळटा.

रोयणीवयल्या अळम्यांवांगडाच (टर्मिटोमायसीज) फुगो, माडफुगो, काजुफुगो (बोलीटस / गायरॉडॉन), शिती/ शितळा शिंगार अळमी (पोडाब्रेला), तेल अळमें (मॅक्रोलेपिओटा), खूट / खुट्याळें अळमें (प्लुटियस), सोरपा अळमें, पणसा अळमें (प्लुरोटस) ह्याच प्रकाराचीं अळमीं ह्या वाठारांत मेळटात.

विखारी अळमीं (डेथकॅप) : अळम्यांमदीं विखारी अळम्यांचोय जाती आसात. अशी अळमीं खावंचीं नासता. विखारी अळम्यांमदीं अमानिता फॅलॉइडस (डेथ कॅप) विखारी अळमीं खावंन जीं मरणां आयल्यांत तातुंतली सुमार ९० % मरणां हींच अळमीं खावंन आयल्यात. म्हणून हाका 'डेथ कॅप' हें नांव पडलां. ८ ते ९ सें. मी. लांबायेचो धवसर देंठ. अर्दगोल आनी अर्दसपाट मांसाळ सत्रेचो रंग धवसर, हळडुवसार आनी तपकिरी आसता. पाचवेंसार वा हळडुवसार शिरांचो आंकडो व्हड आसता.

अमानिता मस्कॅरिया (फ्लाय ऍगॅरिक) : हीं अळमीं १० ते १२ सें. मी. उंचायेचीं आसता आनी सत्रेचो घेर ९ ते १२ सें. मी. आसता. शेंदुरी वा नारिंगी रंगाच्या ह्या अळम्याचेर चकचकीत हळडुवसार धवें तिपके आसता. दाट शिरांचो रंग हळडुवो वा धवो आसता.

ह्या दोन जातीभायर रुस्सुला एमेटिका (स्कॅफ), गायरोमित्र एस्क्युलेण्टा (पर्स) एफ आर, पॅनाइओल्स स्पे, स्ट्रोफेरिया सेमिग्लोबॅटा (बॅट्रस्ख) अशो कांय आनीक अळम्यांच्यो विखारी जाती आसात.

गोंयांत, काणकोणां तालुक्यांतल्या भटपाल गांवांत डॉ. संगम कुराडे हाणें बुतांव - अळम्यांचें (Bottom Mushroom) व्हड प्रमाणांत उत्पन्न घेवपाचो प्रकल्प चालीक लायला. अन्न विज्ञानांत अधीकृत शिकप घेतिल्ल्या डॉ. कुराडेन १९९४ त हो प्रकल्प सुरू केलो. २००४ मेरेन थंय फायदेशीर उत्पादन मेळपाक लागलें. सद्याक दिसाक देड - टन बुतांव अळमी घेवपाइतकी ह्या प्रकल्पाची क्षमता वाडल्या. हांगचें अळम्याचें उत्पादन गोंय आनी गोंयाभायल्या बाजारांत लोकप्रिय जालां.

– विश्राम गांवकार

– सं. मं.

अळम्यांचें तोंडाक : साहित्य : १०० अळमीं, ६ कांदे (आडवे चिरप), ४ कांदे (उबे चिरप), १० लवंगां, पाव जायफळ, २० तांबड्यो मिरसांगो, २ इंच तिखी, १ धाकटो चमचो पत्री, २ पाकळ्यो दगडफूल, ६ लसणिच्यो बोयो, थोडी आमटाण, २ चमचें तेल, वाटीभर कोथमिऱ्यो, एका नाल्लाची सोय, रुचीपुरतें मीठ, उदक.

अळमीं बरोच वेळ फुगत घालचीं आनी उपरांत हातांनी माती वचसर निवळ करचीं. धुतिल्लीं अळमीं मदीं उबीं चिरचीं.

एका लोखण्यांत चमचोभर तेल घालून लवंगां, जायफळ, तिखी, पत्री, दगडफूल, तांबड्यो मिरसांगो, लसणिच्यो बोयो फुलोवन काडच्यो त्याच तेलांत चिरिल्लो कांदो घालचो आनी तो तांबसो जाल्या उपरांत सोय घालची. मंद गॅसाचेर सोय भाजची. तांबडी जाल्या उपरांत सोय काडची. फुलोवन घेतिल्लो मसालो आनी भाजून घेतिल्ली सोय थोडी आमटाण

घालून मिक्सरार भरभरीत वांटची.

एका आयदनांत चमचोभर तेल घालून कांदो आनी अळमीं मिस्तुराद करून परतुचीं. आपशीच ताका उदक सुट्टलें. ताचेर धांपणें धांपचें. वाटिल्लो सगळो सांबार घालचो आनी थोडें उदक घालून कांदो शिजसर शिजोवचें. कांदो शिजलो म्हणटकच अळमीं शिजलीं अशें समजुपाचें. शिजतकच वांटल्या ती सोय घालची, मीठ घालचें आनी बरें चाळचें. बरो खतखतो येतकच गॅसावेलें सकल काडचें. हें तोंडाक जेवणा वांगडा एक तोंडाक लावपाचो पदार्थ म्हणून खातात वा सकाळचे सांजचे चायेक पाव-पुरये वांगडा खाता.

– सं. मं.

अळवती : पळयात : आळूवडी

अळसांदो : पळयात : चवळी

अळसांद्याचें तोंडाक : पळयात : चवळे तोंडाक

अळूवती : पळयात : आळूवडी

अक्षता : तांबडी पिंजर वा हळद घालून रंगयल्ल्या तांदळांक अक्षता अशें म्हणटात. देवपुजेंतलें 'अक्षता' हें मुखेल पुजे सामान आसा. देवाक अक्षता ओंपतात. म्हापुजेंतली आंगपुजा आनी आवरणपुजा अक्षता घालुनूच करतात. देव-देवतांक दवरिल्ल्या सुपारेचेर अक्षता घालून देवाक होरायतात. त्या संबंदान मंत्र आसा :

अक्षतास्तण्डुलाः शुभ्राः कुङ्कुमेन विराजिताः।
मया निवेदिता भक्त्या गृहाण परमेश्वर ॥

अर्थ : कुंकमान रंगयल्ले धवे तांदूळ म्हणजेंच अक्षता हांव तुका भक्तिभावान ओंपता. देवा परमेश्वरा, त्यो तूं स्वीकार करून घे.

लग्नावेळार न्हवऱ्या-व्हंकलेचेर आनी मुजीवेळार मुंज्याचेर अक्षता उडोवपाची पद्धत पुर्विल्ल्या काळांसावन चलत आयल्या. अक्षतेंतले तांदूळ सुपीकपणाचें प्रतीक अशें मानतात. न्हवऱ्या-व्हंकलेचें लग्न संततीन फळाक येवचें होच उद्देश तातूंत आसता. अक्षता भुता - खेतांचें निवारण करतात असो समज आसा. देखुनूच, न्हवऱ्या-व्हकलेक भुतांची दिश्ट लागची न्हय म्हूण तांचेर अक्षता उडयतात. लग्नांत 'अक्षतारोपण' हो एक वेगळोच विधी आसा. तुळशी लग्नातूय अक्षतांचो वापर करतात. ब्राह्मण आशिर्वाद दितना अक्षता माथ्यार घालतात. घरांत सोरोप येवचो न्ही म्हण मंत्रायल्ल्यो अक्षता घराभोंवतणी शिंपडायतात. आदीं लग्नाक आमंत्रण दिवपाक होवळीक पत्रिका दिवपाची चाल नाशिल्ली. हे वेळार लग्नाक आमंत्रण दितना हुंबऱ्यार अक्षता दवरून लग्नाक आमंत्रण दिवपाचीं चाल आशिल्ली. हालींच्या काळांत लग्नसुवाळ्यांनी वेगवेगळ्या रंगान रंगयल्ल्या तांदळांच्या अक्षतांचो वापर केल्लो दिसता. ह्या अक्षता वयल्यान आजकाल हिंदू धर्मांत चलयांक 'अक्षता' हें नांव दवरिल्लें आयकूंक मेळटा.

– सं. मं.

अक्षय तृतीया : वैशाख म्हयन्याची शुक्ल पक्षांतली तिसरी (तृतीय) तीथ. श्री विष्णूचो सवो अवतार आशिल्ल्या परशुरामाचो हो जल्म दीस. हिंदू पंचागाप्रमाण, साडेतीन शुभ म्हुर्तांमदलो अक्षय तृतिया हो एक शुभम्हूर्त. चैत्र म्हयन्याची शुक्ल पक्षांतली पयली तीथ (गुढी पाडवो), अश्वीन म्हयन्याची शुक्ल पक्षांतली धावी तीथ (विजयादशमी) आनी अक्षय तृतिया हे तीन पुराय शुभ म्हूर्त आनी कार्तीक म्हयन्यांतली एकादस हो अर्ध शुभ म्हूर्त, मेळून साडेतीन म्हूर्त जाता.

ह्या साडेतीन म्हुर्तांच्या दिसांनी कसलेंय बरें काम केल्यार तें यशाक पावता असो हिंदू लोकांचो भावार्थ आसा. म्हणून ह्या म्हुर्ता दिसा लोक नव्या घरांत प्रवेश करता, नवें उद्योग धंदे सुरू करता, वाहन, जमीन, भांगर, रूपे खरेदी करता. 'अक्षय' म्हणजे नश्ट ना जावपी. सदांच उरपी असो ह्या दिसाचो महिमा आसा. म्हणून ह्या दिसा केल्ली पुजा, हवन, दान - धर्म बरें फळ दिता अशी लोकांची भावना आसा. तशेंच अक्षय तृतियेक केल्ल्या कामाचो आरंभ, काम सफलतायेन पुराय करता असो विस्वास आसा. ते खातीर लोक अक्षय तृतिये दिसा भांगर विकत घेवन घरांत धनलक्ष्मी हाडटा. ह्या दिसाच्या म्हुर्तार लग्नां करपाचीय पद्दत आसा. गोंय धरून कोंकणा खातीर ह्या दिसाचें आनीक एक म्हत्व म्हणजे हे तिथिचो आनी परशुरामाचो संबंध आसा. अक्षय तृतिया हो परशुरामाचो जल्म दीस मानतात. परशुरामान दर्याक कुशीक करून कोंकण प्रदेश निर्माण केलो. ह्या प्रदेशाक परशुराम क्षेत्र वा परशुराम भुमी म्हणूनय ते खातीर पाचारप जाता.

– सं. मं.

आंकूर (ॲक्रोस्टीचम ओरेयम) : एक आपजिवी वनस्पत. ही उदकाच्या सांठ्या सभोवतणिचे जमनीदेगेर आपशींच वाडटा. खाजन–जमनींत ही वनस्पत मोठ्या प्रमाणांत जाता. लांबट, पसरट, गाड पाचव्या रंगाच्या लांबट पातींकशीं पानांचीं हीं झोंपां (bushes) एकाक लागून एक अशीं उदकादेगेर वाडटा. ह्या झोपाची नवी कोंबरी मोव आनी वयलेवटेन कवळिल्ले गोठाणिसारकी वाटकुळीच दोडिल्ली आसता. ल्हव ल्हव करून कोंबरेचे दोड उक्ती जाता आनी एका मध्यवर्ती कांडयेचेर एका फाटल्यान एक अशीं पानां मुळाकडसून पसरतात. हे वनस्पतिच्या कंवळ्या कोंबऱ्यांची भाजी करून खाता. कोंबऱ्याचो वयलेकडचो मोव तन्नो भाग घेवन फाव सो गरम मसालो (हो मसालो चडसो चिकन–मटन मसाल्यासारखे आसता.) घालून बरी शिजयता. आंकुराची तोरट रुच, ताचें हरवेंपण आनी गरम मसाल्याची ताका मेळिल्ली जोड हेखातीर आकुराचें तोणाक हें मटणासारकें चमचमीत रुचिचें जाता. आंकुराचीं झोपां खाजन जमनीर चड प्रमाणांत जाता आसलीं, आनी तीं चड रुचीक आसता आसलीं, तरी ही वनस्पत रानांतय जाता आनी तिचोय भाज्जेखातीर वापर करता. तंतू, जिवनसत्त्वां आनी धातूनी भरिल्ली आंकुराची भाजी भलायकेक बरी आसता.

– सं. मं.

आंग्रे, कान्होजी : (जल्म : १६६७ काळोसे–पुणे, मरण : ४ जुलय १७२९, अलिबाग)

मराठ्यांच्या इतिहासांतलो नामनेचो नावीक झुजारी. पुणे जिल्ल्यांतलो काळोसे हो ताचो मूळ गांव आनी संकपाळ – शंकपाळ – शंखपाळ हे



मूळ आडनांव. काळोसे गांवांतल्या आंगारवाडी ह्या वाठाराक लागून ताका आंग्रे हें आडनांव पडलें. ताचो बापूय तुकोजी हाणें शिवाजीच्या आरमारांत २५ जाणांची सरदारी केल्ली अशें म्हणटात. कान्होजीक मधुराबाई, लक्ष्मीबाई आनी गहिनाबाई अशो तीन बायलो आनी स चले आशिल्ले.

मराठ्यांक जिखपाखातीर औरंगजेब १६८१ सुमाराक महाराष्ट्रांत आयलो. त्या वेळार कान्होजीचो कोंक पट्टितलो वावर निकतोच सुरू जाल्लो. १६९४ पसून १६९८ मेरेन कोंकणपट्टेंतल्या मोगलांनी आनी हेरांनीं काबीज केल्ले मराठ्यांचे चडशे किल्ले ताणें परत घेतले. छत्रपती राजारामान ताचो हो वावर पळोवन ताका 'सरखेल' हो किताब दिलो. १६९६ वर्सा ताणें कुलाबा (आतांचो रायगड) जिखून थंय आपले ठाणे केलें. राजारामान कान्होजीक मराठी आरमाराचो मुखेल अधिकारी म्हूण नेमलो. राजारामाच्या मरणाउपरांत (१७००) थोड्याच वर्सांभीतर शाहूची सुटका जावन १७०७ वर्सा तो छत्रपतीच्या राजासनार बसलो. त्याच वेळार राजारामाची बायल ताराबाई आनी पुतण्यो शाहू हांचो राजसत्तेविशीं तंटो सुरू जालो. कान्होजीन ताराबाईच्या पंगडावटेन रावन १७०७ ते १७१० मेरेन खूब जैतां मेळयलीं. ताराबाईन सावंतवाडी ते मुंबयमेरेनचे दर्यादिगेचे राखणेखातीर मराठी आरमाराचो मुखेली म्हूण ताका नेमलो आनी ब्रिटिशांचो पालव घेवन शाहून कसलोच विरोध करचो न्हय ह्या हेतान राजमाचीचो किल्लो आनी भिवंडी प्रांताचेर नदर दवरपाची जापसालदारकी कान्होजीचेर सोंपयली. १७१३ वर्सा शाहून कान्होजीआड बहिरोपंत पिंगळे हाका चाल करून धाडलो. कान्होजीन ताचेर जैत मेळयलें आनी ताका बंदखणींत घालो. ताका लागून शाहून बाळाजी विश्वनाथ पेशव्याक कान्होजीचेर चाल करून धाडलो. बाळाजीन कान्होजीवांगडा एकचार करून तह केलो. तातूंत कान्होजीक १० जंजिरे आनी

१६ किल्ले मेळ्ळे आनी ताणें शाहूचो अंकीत जावन वर्साक १२,००० रु. दिवपाचें थारायलें. शाहून ताका सबंद आरमाराचो मुखेली केलो. अशेतरेन तो शाहूच्या पंगडाक मेळ्ळो आनी अखेरमेरेन तातूंतच निश्टेन वावुरलो.

कान्होजीचो शेक कोंकण दर्यादेगेर कोट मांडवीसावन त्रावणकोरमेरेन फांकलो ताका लागून त्या काळांतले फ्रेंच, इंग्लीश, पोर्तुगीज आनी डच हे परकी लोक तशेंच जंजिरा हांगाचो सिद्धी जळपाक लागलो. देखून इंग्लीश, उच, पोर्तुगेज आनी फ्रेंच लोकांनी केन्ना स्वतंत्रपणान तर केन्ना एकठांय जावन कान्होजीचेर घुरी घाली. पूण कान्होजीन दर खेपे तांकां सगळ्यांक हरयले. आंग्र्यांच्या शेखाखाल सागरी प्रदेशांतल्यान येरादारी करतल्यांक दस्तक (मान्यताय) घेवची पडटाली. कान्होजीन कुलाबा आनी विजयदूर्ग हांगा व्हडी बांदपाखातीर गोदीय तयार केल्यो.

– सं. मं.

आंगठे धरप (ओणवो रावप) : आपल्या पांयांचे दोनय आंगठे आपल्या हातांनी धरून ओणवो रावपाची क्रिया. आदल्या काळांत शाळेंतल्या विद्यार्थ्यांक, तांचे चुकिखातीर, ही क्रिया करपाची ख्यास्त फर्मायताले. हाताच्या बोटांनी पायांचे आंगठे धरून ओणवो रावतल्याच्या

कंबरार, धोंपरार ताण पडून ताचे कुडीक त्रास सहन करचो पडटालो. कांय वेळार आंगठे धरतल्याचे फाटीर, मानेर पुस्तक, पट्टी वा तत्सम वस्त दवरताले. ती थंयच्यान सकयल पडूंक जायना असो दंडक आशिल्ल्यान, ओणवो रावतल्याक कुडिची हालचाल न करता मुकाट्यांन कुडिचे त्रास सोंसून रावचो पडटालो. चुकिचे खरसाणीप्रमाण आंगठे धरपाचे ख्यास्तिचो काळ थारतालो. आदल्या काळार शाळांनी, घरांनी सर्रासपणान घोळणुकेंत आशिल्लो हो खास्तिचो प्रकार आधुनीक शिक्षण–शास्त्रांत तशें बाल–मानसशास्त्रांत अमानवी थारिल्ल्यान तो काळाभायरो जाला. अशे तरेची ख्यास्त दिवपाक आतां कायद्यानय बंदी आसा.

– सं. मं.

आंगण : घरां मुखावयलो मेकळो जागो हाका 'आंगण' म्हणटात. फातर चारूय वटेन दवरतात आनी माती मर्दीं घालून एक तळ करतात आनी पेट्टात. ताका शेण बी सारोवन निवळ करतात. हिंदुच्या आंगणात मर्दीं तूळस आसता, कांय कडेन चारूय वटेन शोभेची वा फुलांची झाडां लायतात. गांवांतल्या प्रत्येक घरांमुखार आंगण आसताच, कोंकणांतल्या सगळ्या हिंदुच्या घरांमुखार आंगण आसताच. हें एक खाशेलेंपण. जंय आंगणां व्हडलीं आसता थंय केळीं, पोपायो हीं झाडां लायतात. जर चार चवक्यांची घरां आसतात थंय मर्दीं व्हडलें आंगण आसता आनी चारूय वटेन चवक्यो आसतात ताका 'राजांगण' म्हणटात. कांय व्हडल्या आंगणानी जेवतकूच तोंड धुवपाक मोरी केल्ली आसता. आंगणांचे उपेग खूब आसात. तुळशी लग्न हे आंगणांतूच जाता. ताच्या भायर पयलीं पयलीं घरांतली लग्नां कांयकडेन

आंगणांतूच माटोव घालून करताले. आंगण हें घरांतले लोक एकठांय येवपाचो जागो. आंगण हें हिंदुच्या संस्कृतीचे आंग. चार चवक्यांच्या घरांतल्या राजांगणांत चारय वटेन भुरगीं जाणटी बसून व्यवस्थीत आनंद घेताले. पयलीं चार चवक्यांच्या घरांनी बिराडां खूब आशिल्ल्यान भुरगीं-बाळां थंयच खेळटालीं. तशेंच बायलांक आंगणांत बसून गजाली करूंक मेळटाल्यो. तशेंच ओलें कपडे, घरगुती जिन्नस सूकत घालूंक मेळटाले. शिगम्याच्या दिसांनीं आंगणांपरस दुसरो बरो जागो नाशिल्लो. शिगम्याचो मेळ येतकीच आंगणांत घुडी दवरताले. आंगणांत 'ज्योत' म्हणून नाचताले. तशोच तालगड्यो खेळटाल्यो. आंगणाचो बरो बरो उपेग जातालो. कुळागरां धनयाची आनी शेतकामत्यांचीं जीं घरां आसतात तांकां आंगणांपासून आर्थीक लाव खूब मेळटा. सुपारी पाडून जातकच ती आंगणांत सुकयतात. भिण्णां फोडपासारखी कामां आंगणांत करतात. भिण्णांची सोलां, वोंठाची सोलां, साठां हें सगळें आंगणांत सुकयतात. तशेंच शेतकामती भात मळटात, सुकयतात आंगणातूच. पावस पडटकूच आंगण पेड्ड्यार जातालें. त्याखातीर प्रत्येक पावसाळ्यां उपरांत तुळशी लग्ना वेळार आंगण पेट्टात. लग्नावेळार आंगणांत माटव घालतात आनी घराक सोबा हाडटात. आंगण हो घराचो सामको भाग असो. पूण ल्हव ल्हव हो प्रकार कमी जायत चल्ला. गांवाचे शारीकरण जायत चल्लां. पयशांच्या हावेसान घरां मोडून इमारती बांदतात. ताका लागून आंगणा ना जायत चल्ल्यां. शारीकरण जाल्ल्यान शारांत लेगीत जुनी घरां मोडून जंय आंगणां आशिल्लीं थंय क्रोंक्रीटाची जंगलां उबारल्या. अशें केल्ल्यान आंगणाचेर हावळ आयल्ल्या. जंय थंय फ्लॅट जाल्ल्यान आंगणां ना जाल्या. जंय आंगणा आसा थंयच्यान मळब दिसता. नखेत्रां, चंद्र हांचे दर्शन घेवंक मेळटा. ल्हान भुरग्यांक जेवयतना आवय, आजो, आजी भुरग्यांक आंगणांत हाडटाली आंनी कावळो, चिमणी अशीं सवणीं दाखोवन तांका जेवण लायताली. चार चवक्यांच्या घरांनी मदीं आंगणांत तुळशींचे लग्न जाताले आनी चारूय वेटन भुरगीं-बाळां, जाण्टीं-नेण्टीं सगळीं बसतालीं. हो देखावय सुखदिणो आशिल्लो. आतां फुडारांत आंगण म्हणजे कितें हें सांगचे पडटलें. अशे देखावे आतां कोणाकय दिसपाचे ना.

– श्री. माणिकराव राम नायक गावणेकार

आंगले, प्रभाकर शिवा (पै) : (जल्म २५ सप्टेंबर १९२३, पणजी – गोंय. मरण : ?)

गोंयचो एक उद्योजक आनी विचारवंत. गोंयच्या सामाजीक, शिक्षणीक, सांस्कृतीक आनी आर्थीक उदरगतींत योगदान दिल्ल्या आंगले घराण्यांची परंपरा प्रभाकर आंगले हाणें चलयली. पोबुअण्णा ह्या नांवान तो गोंयभर परिचीत आसलो. ताचें प्राथमीक शिक्षण पणजे जालें. पुर्तुगीज लिसेवाचें शिक्षण पणजेच्या लांयसियमांत जालें. ताणें मुंबय वचून, मुंबय विद्यापिठाची वाणिज्य शाखेंतली पदवी घेतली. पदवी घेवन गोंयांत येतकीर ताणें ताच्या कुटुंबाच्या धंद्यांत लक्ष घालें. ताचें खाशेलेंपण म्हणजे वाणिज्य

शाखेचो विद्यार्थी आनी उद्योग धंद्यांतलो उद्योजक आसूनय ताणें कलेंत रस घेवन आपली उंचेल्या पांवड्यावयलो कला – अभिरुची घडयली. सतार वादनाची कला ताणें आत्मसात केल्ली. भारतीय शास्त्रीय संगिताची आवड आनी ताचो खोलायेचो अभ्यास ताका आसलो. साहित्य, संगीत, नाटक, चित्रकला, खेळ अशा कलामळावयलो तो एक जाणकार आसलो.

स्वतंत्र गोंयचे उभारणिचे प्रक्रियेंत ताचो व्हड हातभार लागला. स्वतंत्र गोंयच्या वेगवेगळ्या उपक्रमांक ताचो सहभाग लाबला. शिक्षणीक परिशद, क्रिडा परिशद, उद्योग परिशद, हांचेर ताणें सल्लागार म्हणून काम केलां. मुंबय विद्यापिठाच्या उद्योग आनी अर्थ विशयाच्या अभ्यास समितिचो तो वांगडी आसलो. गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्सचो दीर्घकाळ उपाध्यक्ष, पश्चीम भारत विभागाच्या आयात – निर्यात सल्लागार समितिचो वांगडी आनी थळाव्या उद्योगीक कंपनिच्या संचालक मंडळार सल्लागार म्हणूनय ताणें काम केलां. कला अकादमी – गोवा हें गोंयचे म्हालगडे कला – संस्थेचो तो उपाध्यक्ष आसलो. ताणें गोंयच्या आर्थीक वेवस्थेचेर मराठींतल्यान तशे इंग्लिशिंतल्यान अभ्यासपूर्ण अशें बरेंच लिखाण केलां. चडशें हें लेखन वेगवेगळ्या नियतकालिकांनी लेखांच्या रुपांत आसा. तरी "गोवा : अॅन इकॉनॉमीक रिव्ह्यू (१९८३)", "गोवा : कॉन्सेप्टस् अॅण्ड मिस कॉन्सेप्टस् (१९९४)" ह्यो ताच्यो पुस्तक रुपां इंग्लीश भाशेंत प्रसिद्ध जाल्ल्यो दोन साहित्य कृती आसात.

– सं. मं.

आंगवण : आपल्या मनांतली इत्सा पुरी जावंची म्हण देवाकडेन मागणी करताना, ती पुरी जातकीर देवाची पुजा – अर्चा करपाचे, आनी देवाक दान–धर्म करपाचें देवाक उतर दिवप जाता ताका 'आंगवण करप' म्हणटा. इत्सा पुराय जाले उप्रांत दिल्लें उतर पाळप जाता, ताका 'आंगवण पावप' म्हणटा. देवावांगडा, देवाचेर, जाग्याचो, घरपुरीस हांकांय आंगवण करता. 'आंगवण' हें उत्तर आंगवणा हो प्रकार, स तरांतल्यान कर्मांमदल्या 'काम्यकर्म' कर्माखाला येता. 'काम्यकर्म' हें सर्वसादारणपणान इत्सा पुरी जावंचे पयलीं करता. आंगवण सर्वसादारणपणान इत्सा पुरी जाली म्हणटकीर पावप जाता. केल्ली आंगवण, इत्सा पुरी जावंनय केलिना तर संबंधीत दैवताचें रागणें जांवन उरफाटो आनी वायट परिणाम जाता अशें मानता.

आंगवण करपाची पद्दत 'देव' हे संकल्पने वांगडाच अस्तित्वांक आयल्या आसूं येता. पुराणांत आंगवणिचो उल्लेख मेळटा. सत्यनारायण व्रताचे कथेंत साधुवाण्यान केल्ली आंगवण पावयलिना म्हणून सत्यनारायणाचो कोप जावंन ताचेर संकश्टां आयलीं अशी कथा आसा. हे कथेंत आंगवणीक 'प्रतिज्ञा' म्हटलां. 'भ्रश्ट प्रतिज्ञा अलोक्य शापम् तस्मै प्रदत्तवाना' असो देवान साधुवाण्याक हे कथेंत स्राप दिला.

आंगवणीचे प्रकार अशे आसात.

व्रतां : सत्यनारायण व्रत, वरदशंकर व्रत, सोळा सोमार, सोळा शुक्रार, अभिशेक, महारुद्र आदी.

वस्ती : भांगरा रुप्याच्यो वस्ती, खण – कापड, तुळा भार, नाल्ल, मुर्त्यां, गिरेस्त लोक देवळाचो कळस, वा हेर बांदकाम, लालखी–रथ, प्राणी : कोंबो, बोकडो, रेडो अर्पण करप. अशोय वस्ती देवाक अंगवणीच्या रुपान दान करता.

कश्ट घेवप : साश्टांग नमस्कार, लोटांगण, हुंबरे

धूवप, उपास, उक्त्यांपणांनी देव दर्शन करप.

प्रासंगीक : पालखेपोंदच्यान वचप, गणपती विसर्जनावेळार गणपती पावयतल्याच्या जागांमदसून वचप, चार घरांनी भीक मागून व्रतां करप, माटोळेक भुरग्याक बांदप, चवथीक गणपतीक पांच ते शंभर नाल्लां मेरेनची पंचखाद्येचो निवेद दाखोवप. पांच, सात, आठ, इकरा दीस चवथिचो गणपती दवरप कांय देव देवतांच्यो खाशेल्यो आंगवणी आसता. देखीक : महाराष्ट्रांत खंडोब आनी कर्नाटकांत रेणुका ह्यां दैवतांक भुरग्यांक ओंपपाची चाल कांय लोकांमदीं आसा. हीं भुरगीं मागीर त्या दैवतांची सेवेक आपली जीण सारता. आंध्रांत, तिरुपती देवस्थानांतले हुंडेंत दिसपट्टे लाखांनी रुपयांची रक्कम आनी भांगरां – शिंगरा लोक आंगवणीच्या रुपान घालता. तिरुपतीक वचून आपले केंस दान करपाचीय आंगवण दादले तशो बायलो करता. ओल्ड –गोवाच्या संत शाव्हींयर ह्या ख्रिस्ती संताक सगळ्या धर्मांचे लोक मेणवाती आनी मेणाच्या अवयवाची आकृती (ज्या अवयवाची पिडा वचची म्हण आंगवण केल्ली तो अवयव) अर्पण करता. मुसलमान धर्मांत आंगवणीक 'मिन्नत मानप' म्हणटात. रुप्या घोडे, हत्ती, दर्गाक चादर दिवपाचे आंगवणी वांगडाच गरीब लोकांक अन्न, वस्त्र सारकिल्यो वस्तू दिवन आंगवण फेडटात.

आंगवणी फाटल्यान तसो विज्ञानीक आदार नासलो तरी थंय भावार्थ आनी भक्ती आसा. 'लॉ ऑफ एवरेज' प्रमाण सर्व सादारणपणान कोणाची ना कोणाची इत्सा सफल जावप सभावीक आसा. जाची ती जाल्या तो देवावयल्यां भावार्थान सांगून घेतिल्ली आंगवण पावती करता. जाची ती जावंकना तो आंगवण पावती करिना. हो भावनीक वेव्हार आशिल्ल्यान ताचेर कोण भासाभास करूंक वचना. अशें आसलें तरी आंगवणी वरवीं एक बरें कार्य जावंक पावता. हाची दखल घेवंची लागता. आंगवणी निमतान लोकांकडसून जो दान–धर्म जाता तो समाजहितांकारी जाता आशिल्ल्यान ताचो आडवाटेन जायना, सामाजाक फायदो जाता.

– श्री. माणिकराव राम नायक गावणेकर

– सं. मं.

आंगांत योवप : पळयात : अवसर

आंगारो : आंगारो हो शब्द 'अंगार' म्हणजेच निखारो ह्या शब्दावयल्यान आयला. यज्ञ, हवन वा धुपाच्यो आरती करतात तेन्ना त्या कुंडांतलो पालयल्लो कोळसो, बिबूत भस्म हाका 'आंगारो' म्हणटात. आंगाऱ्याक म्हत्व हें पुराणकाळांपासून आसा. ताचे कारण म्हळ्यार मंत्रांत एक शक्त आसता अशें मानतात. ही शक्त खंयच्याय वस्तूंत स्थानांतर करूं येता अशें समजतात. त्याखातीर बरेंच बाबा लोक दोरे – बिबूत मंत्रून दितात आनी ती आंगांक लायतगीर रोग बी बरें जाता असो समज आसा.

वैष्णव सांप्रदायांत आंगाऱ्याची उभी वळ कपलाक लायतात आनी ताच्या सकयल इल्लोसो कुंकूम लायता. पलयीच्या काळांत वैष्णव गोंयकार माथ्याक तांबडी तोपी, धोतर, बंडी आनी कपलाक अशें तरेचो आंगारो लायल्याशिवाय भायर सर नाशिल्लो. आता लेगीत कांय घरांनी बऱ्या कार्याक आंगारो लायतात. बाळांतणी, भुरग्यांक कसलीच पिडा बादूं नये म्हणून आंगारो लायतात. भूत बादा वा दिश्ट लागची न्ही म्हणून देवाचो आंगारो कपलाक

लायतात.

श्री. दत्तात्रयाच्या आनी श्री महादेवाच्या देवळांत आंगारो दवरतात. तीर्थ आनी फुलां प्रसाद घेतगीर हो आंगारो कपलाक लावप अशी प्रथा आसा. बरेंच ज्योतिशी आसो वा घुलो काडून आंगारो मंत्रून दितात. आंगारो घरांत दवरल्यार सगळीं संकश्टां पयस उरतात असो समज आसा.

हिंदू धर्मांत बऱ्याच ग्रंथांनी आंगारो, बिबूत, भस्म हाचें म्हत्व सांगलां. समरक्षा, शिंवकंवच, मारूतीस्तोत्र हांचे वाचन करून आंगारो मंत्रून दिवपाची चाल आसा.

गुरुचरित्रांत अशें म्हळां,

'भस्मधारणे पापे जाती। बेचाळीस वंशादि ॥

'शिंवकवचां'त अशें म्हळां,

'भस्म धारण सामर्थ्यात शत्रुसैन्यं विलेण्यासि॥

'गुरुचरित्रांत' अशें म्हळां,

'भस्मधारण सामर्थ्यात शत्रुसैन्यं विलेष्यसि॥

'गुरूचरित्रांत' आंगाऱ्याच्या म्हत्वाविशीं कितल्योशोच कथा आसा. पुराणांत एक क था आसा. अरुधंती ही एक ऋशीची बायल. ती अग्नीहोत्राच्या कुंडांतल्यान आंगारो काडून मेल्ल्या ब्राह्मणाच्या कपलाक लायता आनी तो ब्राह्मण मागीर जिवो जाता. नवनाथ संप्रदायांत, भस्मा विशीं म्हत्व सांगलां. ह्या संप्रदायांतलो गोरखनाथ हाचो जल्म गोबरांतल्यान जालो अशी आख्यायिका आसा. कर्नाटकांत विरशेव पंथाचे दादले आनी बायलां सदांच कपलाक भस्म आंगारो लायतात. भस्म लायतगीर कूड आनी मन शुद्ध जाता असो समज आसा.

गोंयांत दसऱ्याक बऱ्यांच देवळांनी थारावीक मनशांचेर भार येता. नागेशी, महालक्ष्मी, रामनाथी माङ्डोळा, आनी बाकी देवळांनी रवळनाथ, भूतनाथ ह्या देवाचो मनशाचे कुडीचेर भार येता. बांदोड्यांक कार्तिक पुनवेक पुर्वचार्याच्या देवळांत जो भार येता ताका 'टोक्या' भार म्हणटात. तो सगळ्यांत लांब कोंडो घेवन ताका मुर्ती लावन फिरतात. हे सगळे भार मनीस कौल घेताना म्हणजेच नाल्लार बिबूत घालून तो घरा व्हरपाक दिता. तो नाल्ल घरात वर्सभर दवरतात. अशे केल्ल्यान घरांक राखण मेळटा असो समज आसा. विज्ञानीक नदरेन हाका कांयच आदर ना. चड करून पयलींच्या काळांत जेन्ना हे सुरू केल्ले त्यावेळार आरोग्याच्या मळार प्रगती जावंक नाशिल्ली. त्यावेळार अज्ञान चड आशिल्ले. ते खातीर कसलेंय दुयेंस, पिडा अडचणी निर्माण जाल्यो तर घाडी, भगत हांचे कडेन वचप आनी मंत्रयल्लो आंगारो घेवन येवप आनी तो लायलो की सगळ्यो पिडा निवारण जातल्यो असो समज आशिल्लो. संत तुकाराम आपल्या एका अभंगांत म्हणटा : 'तुका म्हणे भोग सरे गुण देती अंगारे.' आंगारो म्हणजे गोबोर ही विशिश्ट अशा जिनसांची जळून जाल्ली राख. हे राखेंत त्या जिनसांचे गूण आसप सभावीक आसा आनी ते गूण भलायकेचे नदरेन बरें पडप न्हयकारूंक जावंचे ना. आदल्या तेंपावेल्या वैजकी उपचाराची पद्दत म्हणून तिचो स्विकार जावपाची शक्यताय न्हयेकारूंक जावंची ना.

– श्री. माणिकराव राम नायक गावणेकार

आट्यांनी : आदल्या काळांतलो, गांवगिऱ्या वाठारांतलो एक सादो खेळ.

साहित्य : १) सायकलिचो, मोटरसायकलिचो वा एकाद्र्या पत्र्याच्या बॅरलाच्या कडेचो वांटकुळो आटो (रींग) नाजाल्यार सायकल स्कूटर वा मोटर सायकलिचो रबरी टायर. २) तो चलोवपाक घट्ट अशी



सरी : तिका एकेवटेन लाकडी मूठ घालतात. दुसऱ्या पोंतार तार मातशी बागोवन ताजो 'U' असो आकार करतात. ३) खेळांत जर रबराच्या टायरांचो वापर करतलो जाल्यार हे सरयेची गरज लागना. फकत एक फूट ते देड फुटाची बारीक बडी पुरो जाता.

खेळाचो प्रकार – हो खेळ पंगडानीं वा एकल्यान उमेदी प्रमाण खेळूं येता. हो मैदानी खेळाचो प्रकार आसा. पावस सोडून केन्नाय हो खेळ खेळटात. वत मोव जातकीर हो खेळ खेळटात. ५ ते १० वर्सां मेरेनचे चलै भुरगे हो खेळ खेळटात.

नेम आनी अटी : खेळ सुरू करतना आटो वा टायर हातांतले सरयेच्या वा बडयेच्या आदारान धुकलून धुकलून व्हरतात. आटो ज़मनीर आडवो पडूंक दिनात. पडलो जाल्यार तो गडी बाद जाता.

खेळपाची पद्धत / रीत हो खेळ सर्ती लावन खेळटात. दरेकलो एक एक करून खेळाक सुरवात करता. बाकीचे तोमेरेन आटो / टायर चलोवपाचे ताचो वेळ पळयतात. ताचो आटो / टायर जमनीर आडवो पडटकीर दुसरो चलयता वा खेळटा. हे तरेन सगल्यांचे चलोवन / खेळून जातकीर खंयच्या गड्यान चड वेळ आटो जमनीर पडनासतना खेळूंक घेतलो ताका जैतिवंत थारायतात.

फायदो : १) आट्याक उबो दवरून, सतत बॅलन्सींग (तोल) सांबाळपाची कुशळताय आंगांत येता. २) ताणें बॅलन्सींग दवरतां दवरतां आट्या बरोबर चलप / धांवप जाता आनी आपसूक शरिराक व्यायाम घडटा. ३) एकामेकां मदलीं सांघिक भावनां वाडीक लागता. ४) गांवगिऱ्या वाठारांत हो खेळ खूब खेळटात, कारण खेळाक साहित्य चड लागना. जें लागता तें सहजतायेन, पयशांबगर उपलब्ध जाता.

– एन. सुहास

आंतेर (आंत, रामफळ) : गांवांनी आपशींच किल्लपी वा मुद्दाम रोयिल्लें झाड रामफळ आनी सीताफळ हे आंतोरिच्या फळाचे दोन प्रकार.

१) रामफळ : (इंग्लीश - Bullock's Heart), शास्त्रीय नांव Annona Reticula

रामफळाचें झाड सादारण १० मी. मेरेन ऊंच वाडटा. पानां १०-२० सेंमी. लांब आनी २.५ सेंमी. ते ७.४ सेंमी. रुंद आसता, पानांक एक वेगळोच असो वास येता. फळ ७.५ सेंमी. ते १८ सेंमी. व्यासाचें आसता. फळांत काळ्यो बियो आसतात. फळ चडांतचड १ कि. ग्रॉ. वजनाचें आसूंक शकता. तन्न्यां तशां पिक्या फळांचो रंग पाचवो आसता. ह्या झाडाचो उगम अमेरिकेच्या संयुक्त संस्थानांनी जाला अशें समजतात. पूण कांय जाणकारांच्या मतान ताचो उगम वेस्ट इंडीज जुंव्यांनी जाला.

रामफळ

अमेरिका आनी वेस्ट इंडीज वाठारांनी ह्या झाडाची लागवड बऱ्याच व्हड प्रमाणांत करतात. भारतांतल्या उत्तर प्रदेश राज्यांत ह्या पिकाची सगळ्यांत चड लागवड आसा. गोंयांत ह्या फळांची पद्धतशीर लागवड जायना, पूण चड करून तांच्या पोरसांनी ह्या झाडाचें अस्तित्व दिश्टी पडटा.

ह्या झाडाची लागवड, बी वा कलम वापरून करूंक येता. लागवडिखातीर ६०x६०x६० सेंमी. लांब, रुंद आनी खोल अशा आकाराचे फोंड ८x८ मी. अंतराचेर खण्टात. ह्या फोंड्कुलानीं रेंव, माती आनी कंपोस्ट भरून ताचेर २-३ बिंयो किल्लत घालतात. २०-२५ दिसां उपरांत बीं किल्लून वयर येता. रामफळाचें झाड ६-७ वर्साभितर फळ दिवंक लागता. ऑगस्ट - डिसेंबर म्हयन्यांत तें फुलता. ह्या फुलांची फळां जावंचेखातीर ८ म्हयने लागतात. फळां मार्च ते मे म्हयन्यांत तयार जातात. एक झाड सरासरी ६०-८० फळां दिता.

ओंकारो बंद जावंचेखातीर ह्या फळाचो उपेग जाता. ह्या फळांतलो म्होवलो माथ्यांतल्यो उयो मारून उडोवचे खातीर वापरतात. काळो रंग तयार करचेखातीरय ह्या फळाचो उपेग जाता. पिकिल्ल्या फळाची रुच गोड आसता. ह्या झाडाक कीड वा हेर रोगांचो व्हडलोसो उपद्रव जायना.

२) सीताफळ : (इंग्लीश : Custard Apple, शास्त्रीय नांव Annona Squamosa) सीताफळाचें झाड ७ मी. मेरेन उंच वाडटा. पानां लांबट आसतात. लांबाय सुमार ५-१५ सेंमी. जाल्यार रुंदाय १.९ ते ३.८ सेमी इतली आसता. ह्या पानांक विचित्र असो वास येता. फळांतल्यो बियो लांबोड्यो चॉकलेटी रंगाच्यो आनी चकचकीत आसतात. बियांक वयल्यान फळाचो म्होवळो दशिल्लो आसता. ह्या झाडाचो उगम भारतांत जाला अशें बऱ्याच जाणकारांचें मत आसा. बऱ्याच पोरन्या बरपावळींनी

ह्या झाडाचो उल्लेख मेळटा. पूण कांय जाणांच्या मतान हें झाड मूळ अमेरिकेंतल्यान भारतांत पावलें.

अमेरिकेच्या कॅलिफोर्निया वाठारांत ह्या फळझाडाची व्हड प्रमाणांत लागवड करतात. भारतांत हाची चडांतचड लागवड (६० टक्के) आंध्रप्रदेश राज्यांत जाता. ह्या फळझाडाची लागवड उत्तरप्रदेश, मध्यप्रदेश, बिहार, बंगाल, आसाम, गुजरात, महाराष्ट्र ह्या राज्यांनीय जाता. गोंयांत ह्या झाडाची पद्धतशिरपणान लागवड केल्ली ना, पूण गोंयकाराच्या पोरसांत चडशीं ह्या झाडाक सुवात आसात.

सिताफळ

सीताफळाचें झाड ५ व्या वर्सासावन फळां दिवंक लागता. मार्च–सप्टेंबर मेरेन ताका फुलां येतात आनी उपरांत ४ म्हयन्यांनी म्हळ्यार ऑगस्ट – जानेवारी मेरेन फळ तयार जाता. फळांचो पाचवो रंग वचून हळडुवो रंग पातळूंक सुरवात जाली म्हणटकच फळां पिकून आयल्यात. अशे धरून तीं झाडावयल्यान काडटा. एक झाड सरासरी १००–२०० फळां दिता. कांय झाडां ५०० मेरेन फळां दितात.

सीताफळाच्यो बलसागर, बारबाडोस, ब्रिटीश गिनिया, मामोथ अश्यो जाती आसात. हालींच 'अटेमोया' ही एक नवी संकरीत जात तयार केल्या. ही जात बऱ्या दर्जाचीं फळां दिता आनी हे जातीच्या झाडाच्या पानांनी कोडू रसायन आशिल्ल्यान गोरवां आनी बोकडां हे झाड इबाडूंक शकना.

झाडाची लागवड चडशी बियो रुजोवन करतात. कलम पद्धत वापरूनूय झाडाची लागवड करूंक येता. बी किल्लत घाल्या उपरांत ७–३५ दिसांभितर तिका कोंब येतात. एक वर्स जाल्या उपरांत ५०X५०X५० सेंमी लांब, रुंद आनी खोल फोंडकुलां ६X६ मी. अंतराचेर खणून जून म्हयन्यांत हीं रोंपो तातूंत लायतात. ह्या झाडाक रसायनीक सारें घालपाची गरज ना. वर्सातल्यान एक फावट ताका ५०–७५ कि. ग्रॅ. शेणसारें घालतात.

ह्या झाडाचे बरेच वखदी उपेग जातात. फळांतल्या बियेचो पिठो पोटांत घेतल्यार दंत मरतात हो पिठो मूळ मारचेखातीर घरांत फाफुडटात. पानां वांटून सूज आशिल्ले सुवातेर लायत जाल्यार दूख उणी जाता. पातळ परसाकडेन जावपाचे पिडेचेर ह्या झाडाचे सालीचो रोस काडून पियेतात. सालींतलो दीख चामडे रांपवचेखातीर उपेगी आसता. झाडाचें लाकूड मोव आसलें, तरी ताका वायटी लागना, देखून तें बैलगाडी वा मदेराक वापरतात. हाचे वैजकी उपचार करताना जाणकाऱ्याच्या मार्गदर्शनाखाला करचे.

– सं. मं.

आंबाडो (केंस) – १ : कातीपसून भायर आयिल्ल्या लांब तंतूंसारक्या आनी 'केरॅटीन' ह्या प्रथिन पदार्थांनी तयार जाल्ल्या भागाक 'केंस' अशें म्हणटात. केरॅटीन (Keratine) ह्या घट्ट तंतूमय प्रथिनापसून केंस

तयार जातात. दर एका केंसाक केरॅटीनापासून तयार जाल्लें एक पातळ आवरण आसता, हाका उपचर्म वा क्युटिकल (Cuticle) म्हणटात. उपचर्मासकयल आशिल्लो दाट थर केंसांक घटसाण दिता, जाका कट्टें वा कॉर्टेक्स (Cortex) म्हणटात. ह्या थराभितर आनीक एक सुविर (Spongy) थर आसता, हाका मध्यांग (Medulla) म्हणटात आनी ह्या थराक लागून केंस लवचीक जाता आनी मोडनासतना वांकडो - तिकडो जावंक शकता. केंस वाकडे तिकडे जावपाक लागिल्ल्यान केंसांपसून जायतीं फेशन करपाक मेळटात. देखी दिवच्यो जाल्यार सादी विणी (Simple plait), सागर विणी (French plait) आदी सारक्यो विण्यो घालूंक मेळटा. जायते फावटी केंस लांब आसतकच विणी घालपाक एक मोठो वावर आशिल्ल्यावरीं जाता. हेखातीर चडशीं बायलां केंसाचो आंबाडो बांदपाक सोदतात. साडी, केंसाचो आंबाडो आनी आंबाड्या भोंवतणी फाती माळप हेंच गोंयच्या सवाशीण बायलेची वळख अशें म्हणपाक अतिताय जावची ना. हो आंबाडो घालपाक लेगीत एक विशिश्ट अशी पद्धत आसता. केंसाक तेल घालून, केंसाची झटा सोडून, सगळे केंस एकठांय हाडून दाव्या हातान केंसाक पिवळ घालून उजव्या



हाताचो आधार घेवन केंसाक वेटाळो घालून केंसाचें निमाणें पोंत आंबाडाचे भितरले वटेतल्यान भायर घेवन आनी उरिल्लें केंसाचे पोंत आंबाड्या भोंवतणी रेवंडावप. अशें केले उपरांत आंबाडो घट्ट उरता. आनी तो खंयच्याय खिणाक सुट्टलो हाची भिरांत उरना. गोंयांत लग्न थारिल्ले चलयेची फुलां म्हळ्यारूच देवकार्या दिसा चलयेक आंबाडो बांदपाक लायतात. ह्या दिसा न्हवरेकाराच्या घरचीं सवाशीण बायलां व्हकलेक फुलां माळपाक येतात. हे दिसा सवाशीण बायलां व्हकलेन बांदिल्ल्या घट्ट आंबाड्या भोंवतणी फुलां माळटात. लग्न सुवाळ्या वेळार लेगीत व्हकलेन आंबाडो बांदून सव्यार उबी रावपाची पद्धत आसा. ह्याय वेळार तिच्या आंबाड्या भोंवतणी फात्यो माळटात. उपरांत चली गुरवार जातकच तिका फुलां माळपाची पद्धत गोंयांत आसा. ह्याय वेळार तिच्या आंबाड्या भोंवतणीं फात्यो माळून तिका फुलांनी सजयतात. लग्न सुवाळ्याक, दिवजां वेळार, देवळांनी वतना, तशेंच पुजेक बसतना सवाशीण बायलां आंबाड्यां भोंवतणी फात्यों माळटात. पूण काळाप्रमाण बरोच बदल जाल्ल्यान अशेतरेन आंबाडो बांदून भोंवपी

बायलां कमी दिसपाक लागल्यात. पश्चिमी कडल्यान आयिल्ल्यो फेशन पद्धत बायलां / चलयो आपणावपाक लागिल्ल्यान बायलां / चलयो केंस मोटवें दवरतात. देखून आंकवार चलयो लग्नावेळार फटिचो (artificial) आंबाडो वा गंगवनाचो उपेग करतात.

हालिसरां तरेकवार सौंदर्य प्रसादनां येवपाक लागिल्ल्यान केंस कोंगरे वा उबे करपाक मेळटा. हेखातीर चलयो वा बायलां मानेर केंस सोडटात. तर कांय जाण एकूच शेणकी (Ponytail) बांदून केंस सोडटात. कांय भितरल्या गांवांनी आंबाडो बांदून भोंवपी बायलां आसात. शारांवटेन हाची तुळां केली जाल्यार शारांनी बायलां आंबाडो घालून भोंवप्यांचो आंकडो खूब कमी दिसता. चलयो तर आंबाडो घालीच ना अशें म्हळ्यार जाता. हेखातीर हळूहळू करून आंबाडो बांदपाचेरूय ह्या फुडल्या पिडिंचेर विसर पडपाचो दुबाव आसा.

– सं. मं.



आंबाडो (फळ) – २ : (मराठी – अंबाडा, हिंदी – अम्रा, कन्नड – अमटे, अवटेकाय, संस्कृत – आम्रतक, इंग्लीश – बाइल ट्री, इंडियन हॉग प्लम, लॅटिन – स्पॉडियास मँजिफेरा, कूळ – ॲनाकर्डिएसी)

सुमार १० मी. उंचायेचो हो रुख ब्रह्मदेश, अंदमान, श्रीलंका, हाँगकाँग, हिंदी द्वीप – समूह आनी भारत ह्या देशांनी हाची लागवड जातता.

आंबाडयाच्या झाडाची साल वातड,

दाट आनी गुळगुळीत आसता. ताची पानां मोठीं, एकांमेकांसामकार लांबशी आनी तिरपीं अशी आसतात. फेब्रुवारी – एप्रिल म्हयन्यांत ह्या झाडाक ल्हान, लेव पाचव्या कोराचीं, एकलिंगी वा द्विलिंगी फुलां येतात. तशेंच, नोव्हेंबर – डिसेंबर म्हयन्यांत एकोडी बी आशिल्लीं आमाड्याची फळां घोसांनीं येतात. ताका आंबाडो अशें म्हणटात. आंबाडो दाट पांचव्या रंगाचो आसून पिकतगीर हळडुव्या रंगाचो जाता.

फळाक भायली कात आनी भितरलो काथो हांचे मदीं चिकचिकीत मोव गर आसता. होच गर काथ्यांतय भरिल्लो आसता. बिंयेचें कवच म्हणून आशिल्ल्या ह्या काथ्याची रुच आगळीच आसता.

आंबाडो पिकतकीर खावपाक गोड – आंबट लागता. आंबाड्याचो रोस, चटणी, करम, गोड लोणचें, खळांतले आंबाडे, सासंव आदी जिन्नस करतात. आंबाडे घालून केल्लें सुंगटा हुमण रुचीक लागता. गोंयांत चड करून दिवाळेक धोडायल्ल्या आंबाड्यांची करम करतात. चवथीक गणपती मुखार माटोळेक आंबाड्यांचो घोस बांदतात.

आंबाड्याची साल शितळसाण दिता म्हूण आमांशाचेर घेतात. आंबाड्याचे सालीचें पीठ उदकांत कालोवन सांधेंवातांत (सांधें धरप) सांध्याभायल्यान चोळटात.

आंबाडो स्तंभक (आकुंचन करपी) आनी स्कर्व्ही रोगाक विरोधक. ताच्या पानांचो रोस कानाचे दुखीर लायतात. तशेंच ताचो वासय सुगंधीत आसता. वैजकी उपचार जाणकाराचे बुद्दीन करचे.

– सं. मं.

आंबाड्याची करम : रीत : आंबाडे धुवन, तासून, वेंचून घेवचें.

एका आयदनांत सुमार तीन वाटयो उदक घालचें. तासून आनी चेंचून घेतिल्ले आठ – धा आंबाडे उदकांत घालून सुमार अर्द किलो गोड आनी रुचीपुरतें मीठ घालचें आनी शिजत दवरचें. आंबाड्याचो रंग बदल्लो आनी सालाट मोव पडलें म्हणटकीर चारेक चमचे मिरसांगाचो पिठो आनी अर्द चमचो हळडिचो पिठो घालून मात्शें चाळचें आनी मंद उज्यार दवरचें.

एका आयदनांत तेलांत मेथी, सांसवां, हींग घालून चुलीर बरें फुलोवचें. उपरांत खलबत्यान केल्लो हाचो पिठो, आनी वांटून घेतिल्ली सोय शिजयिल्ल्या आंबाड्यांनी ओतची. सगळें बरें धवळून ताका खतखतो काडचो. खतकतो आयल्या उपरांत करम तयार जाली अशें समजुचें.

– सं. मं.

आंबाड्याचें सांसव (आंबाड्या खोल) : रीत : विसेक आंबाडे धुवून तासून घेवचें. सुमार पन्नास ग्राम सांसवां सुकीं भाजून घेवचीं. तासून दवरिल्ले आमाडे शिजोवचे आनी न्हिवत दवरचे.

एका नाल्लाची सोय, धायेक सुक्यो मिरसांगो, थोडीं मिरयां वांटून घेवचीं. शेवटाक तातूंत सांसवांय मात्शीं मोटिशींच वांटचीं. शिजयिल्ले आंबाडे न्हिवतकच तातूंत हें सगळें वांटप घालचें. दवल्यान सगळे आंबाडे मुड्डुचें. रूच पळोवन गोड आनी मीठ घालचें. बरेतरेन चाळून हें सांसव एकजीव करचें.

– सं. मं.

आंबिये, सोहिरोबा : (जल्म : १७१४, पाळये – पेडणे – गोंय, मरण : १७८९)

एक गोंयकार संतकवी. जातीन सारस्वत ब्राह्मण आसलो. ताचें दायजी गोंयच्यान सावंतवाडी संस्थानच्या बांदे गांवांत येवन राविल्ले. बांदे गांवचें कुलकर्णीपण सुमार २० वर्सां ताचेकडेन आयलें. प्रामाणिकपणान काम करतना लेगीत ताची ओड परमार्थाकडेन आसली.

आंबिये विशीं अशी दंतकथा सांगतात : एक दीस सावंतवाडीच्या राजान ताका कांय म्हत्वाच्या कामाखातीर आपोवणें धाडलें. देवपूजा करून जेवी नासतनाच आंबिये बांदेसावन, वाडीक वचूंक भायर सरलो. वाटेर फळाराक म्हूण ताणें एक पणसूल वांगडा घेतिल्लें. इनसुली गांवच्या व्हाळार हातपांय धुवून तो पणसूल फोडून घरे खावपाक बसलो. इतल्यांत एक तेजस्वी दिव्य पुरुश थंय अवतरलो आनी ताणें सोहिरोबाकडेन पणसूल मागलें आनी खावन जातकच प्रसाद म्हण कांय घरे सोहिरोबाक दिले. सोहिरोबाच्या माथ्यार वरदहस्त दवरून तो दिव्य पुरुश नाच्च जालो. तो मनीस अंतर्धान पावतकच सोहिरोबाची ब्रह्मानंदसमाधी लागली. समाधींतल्यान भानार येतकच सावंतवाडी वचून ताणें लेखणी आनी दप्तर राजा म्हर्‍यांत दवरलें आनी नोकरेचो राजीनामो दिलो. तो दिव्य पुरुश म्हळ्यार मच्छिंद्रनाथाचो शिष्य गैबीनाथ अशें सोहिरोबान फुडें आपले एके कवितेंत बरयलां. अशे तरेन दिक्षा घेतल्या उपरांत २०–२५ वर्सां सोहिरोबा घराच रावलो. भजन, पूजन, ग्रंथवाचन, ग्रंथलेखन, निरुपण हो ताचो सदचो कार्यक्रम आसलो. गैबीनाथचे कृपेन ताका कवित्व स्फूर्त प्राप्त जाली आनी ताणें खूब कविता रचल्यो. ताणें कुलकर्णीपदाचो राजिनामो दितना लेखणी सकयल दवरिल्ली ती परत हातांत धरली ना. ताका लागून ताणें आपल्यो कविता भयणीकडल्यान आनी भुरग्यांकडल्यान बरोवन घेतल्यो.

पिरायेच्या ४० व्या वर्सामेरेन ताणें संवसार केलो. प्रपंचांत आसून लेगीत संवसारापसून अलिप्त रावन मोक्षमार्गाचे दिकेन साधना करपाचे ताचे यत्न चालूच आसलें. हें ताच्या कांय कवितांवेल्यान स्पश्ट जाता.

पिरायेच्या ६० व्या वर्सा सोहिरोबा आपल्या दोनूय पुतांक घेवन उत्तर भारताचे यात्रेक वचूंक भायर सरलो. इ. स. १७७९ वर्सा, काशी, प्रयाग सावन तो ग्वाल्हेराक पावलो. त्या वेळार महादजी शिंदे ग्वाल्हेराचे गादयेर आसलो. दरबारांत आशिल्ल्या जिवबादादा केरकार ह्या गोंयच्या सेनापतीन सोहिरोबाक दरबारांत व्हेलो. त्यावेळार

महादजीन आपणें रचिल्ल्यो कांय कविता सोहिरोबाक दाखयल्यो. सोहिरोबाक त्यो आवडल्योना, आनी ताणें आपलें मत स्पश्ट परगटायलें. ताका लागून महादजी शिंदे तापलो. तेन्ना सोहिरोबान ताका अशी जाप केली :

अवधूत नहीं गरज तेरी ।
हम बेपर्वा फकिरी ।।धृ।।
तुम हो राजा मैं हूँ जोगी ।
पृथक पंथ का न्यरा।
चार कोट जहागीर तुमारी ।
ओही पंथ हमारा ।।१।।
सोना चांदी हमकु नहीं चाहिए ।
अलख भुवन का वासी ।
महाल मुलुख झांट बराबर ।
हम गुरू नामोपासी ।।२।
तुम बी डुबे हम बी डुबाये ।
तेरा हम क्या लिया।।
कहे सोहिरा सुने महादजी ।
प्रकाशजोत गमाया।।

हे घडणुके उपरांत महादजी शिंदेन ससोहिरोबाचो अधिकार पारखून ताका परत भोवमानान दरबारांत आपोवन व्हेलो. ताणें सोहिरोबाक उज्जैन हांगा एक मठ बांदून दिलो. ते उपरांत बदरीकेदार, सोमनाथ, द्वारका, अयोध्या अशीं तिर्थयात्रा करून तो उज्जैन मठांत येवन आपल्या पुतांसयत १० वर्सां रावलो. थंय ताचे शिष्यगण खूब आसले. इ. स. १७८९ वर्सा रामनमीक तो मठांतल्यान भायर सरलो तो परत आयलोच ना.

सोहिरोबा, योगी आनी पुराय वेदान्ती आसून ताचें गिन्यान शुद्ध, पवित्र आनी वैराग्य कडक आसलें. कदांतो ४-४ दीस समाधी अवस्थेंत उरतालो. सगूण भक्तीपरस निर्गूण भक्तीकडेन ताका चड ओड आसली. तांच्या ग्रंथनिर्मितिंतले 'अक्षय बोध', 'महदनुभवेश्वरी', 'पुर्णाक्षरी', 'अंद्वयानंद', 'सिद्धान्तसंहिता' आनी चिरसुखानंद, हे म्हत्वाचे ग्रंथ. हातुंतलो 'महदनुभवेश्वरी' हो ग्रंथ सगळ्यांत व्हडलो आसून ९,००० होंवयांचो ह्या ग्रंथांत १८ अध्याय आसात. 'सिद्धांन्तसंहिता' ह्या ताच्या नामनेच्या ग्रंथांत ताणें मूळ संहितेचेर ५ हजार होवयांची टीका केल्या. ताणें मराठी आनी हिंदी मेळून सुमार ४ हजार पदां बरयल्यात. तांच्या लेखनांत ज्ञानेश्वरी प्रमाणच थळाव्या कोंकणी भाशेंतलें व्हड उतरधन पळोवंक मेळटा. तांच्या आध्यात्मीक काव्य रचनेन, मराठी काव्याक भक्तीकाव्याचें एक आगळे आयाम प्राप्त करून संत परंपरेंत योगदान दिवपाचो भोवमान कोंकणाक प्राप्त जाला. ताच्या 'महदभुवनेश्वरी' ह्या दुर्मीळ ग्रंथाची नवी आवृत्ती, गोमंतक मराठी अकादमीन उजवाडा हाडल्या (२००५).

– सं. मं.

आंबील (नाचण्या पेज, अंबली):

आंबील नाचण्याच्या पिठापासून तयार केल्लो आंबटसार रुचिचो एक पदार्थ.

लागपी जिन्नस : नाचण्याचे पीठ, शिताचो निवोळ वा ताक, चवीक मीठ.

खाण तयार करपाची पद्धत : नाचण्याचें पीठ आनी उदक वा शिताचो निवोळ वा ताक घालून केल्लो, दाटसर जिन्नस.

हो पदार्थ करचे आदले दिसा, थोडें नाचण्याचें पीठ थंड उदकांत खिरोवन आंबोवपाक दवरतात. दुसऱ्या दिसा ताचें आमटें तयार जाता. तें मागीर आंबील

करपाखातीर आदन सळसळावन तातूंत घालतात. हून उदकांत आमट्याचें गुळे जावपाची भिरांत आसता, देखून तें चाळींत रावचें पडटा. उपरांत तातूंत पीठ खिरोवन घालतात. रूचीक फावो तितलें मीठ घालून हें मिश्रण बरें खतखतायतात. हें मिश्रण दाट जातकच आंबील तयार जाता. कांय कडेन नाचण्याचें पीठ आदले दिसा उदकांत भिजोवन आंबोवचे बदला एक वा दोन दीस शिताचो निवळ घेवन तातूंत नाचण्याचें पीठ घोळयतात. आनी तें रांदनीर दवरून पांच मिनटां चाळीत रावन खतखतावन काडटात. फाव ती दाटसाण ये मेरेन हो निवळ धवळटात. कांय कडेन निवळा, बदला ताकाचो उपेग जाता. रूचीक फावो तितलें मीठ घालून हें मिश्रण दाट जातकच आंबील तयार जाता. आंबीलाचे खास अशें प्रकार नात. धंय करचे खातीर अशें विरजण सांबाळचें पडटा, तशें आंबील करचे खातीर 'आमटें' सांबाळचें पडटा.

आंबील खाऱ्या नुस्त्या वांगडा खावपाक रूचीक लागता. रांदिल्लें जितें नुस्तें, आंबली (तोर) हांचे वांगडाय आंबील खातात. जायते फावट आंबिलेंत शिताचे गोंटे वा पेज भरसून पितात. आंबील हो पुश्टीक आनी घटाय दिवपी जिनस आसा. नाचण्यांत 'ब' जिवनसत्व आसता. शेतकार, कश्ट करपी मानाय, वावर करपी लोक, सकाळचें खाण जातकच २-३ वरांनीं आंबील घेतात. हें खाण घेतकच बरोच वेळ भूक लागना. आदल्या काळांत कश्टकरी लोक सकाळची च्या पियेवच्या बदला आंबील घेताले. गांवगिऱ्या वाठारांनीं आयजूय ही पद्धत चलता. गावडे आनी कुणबी जमातींत हो प्रकार चड दिश्टी पडटा. हो पदार्थ करपाक सामको उणोखर्च येता आशिल्ल्यान, आदल्या काळांत हें गरीब लोकांचें अन्न जाताले.

– श्रीमती सुधा सुरेश आमोणकार

आंबेडकर, भीमराव (बाबासाहेब) रामजी :

(जल्म : १४ एप्रील १८९१, महू-मध्यभारत, मरण : ६ डिसेंबर १९५६, दिल्ली)

भारताच्या संविधानाचो शिल्पकार. एक म्हान कायदेपंडित. दलीत लोकांपासत आपली पुराय जीण ओंपिल्लो म्हान भारतीय फुडारी.

ताचो बापूय रामजी सकपाळ लश्करांत सुभेदार आसलो. ताचें आवयचें नांव 'भीमाबाई' आसलें. आजो मालोजी सकपाळ लश्करांत शिपाय आसलो. उपरांत तो मेजर म्हूण निवृत्त जालो. रत्नागिरी जिल्ल्यांतलो आंबवडे हो ताच्या घराण्याचो मूळ गांव आसलो. आवय बापायलो बाबासाहेब चवदावो भुरगो आसलो. तातुंतलीं फकत सात जाण जितीं उल्ली. तो स वर्साचो आसतनाच ताचें आवयक मरण आयलें. उपरांत बापूय आनी आतें भीराबाई हिणें ताका ल्हानाचो व्हड केलो.

बाबासाहेब दोन फावट लग्न जालो. पयलें लग्न सोळा वर्सां पिरायेचेर भिकू वलंणकार हाची धूव 'रमाबाई' हिचेवांगडा जालें. तिका १७ मे १९३५ दिसा मरण आयलें. फुडें ताचें दुसरें लग्न डॉ. शारदा कबीर हिचेवांगडा १५ एप्रील १९४८ वर्सा जालें.

लश्करांतल्यान निवृत्त जातकच ताचो बापूय आपल्या कुटुंबासयत नोकरेखातीर साताऱ्याक आयलो. थंय भीमरावान आपलें मुळावें शिकप घेतलें. शाळेंत शिकतासतना 'आंबेडकर' नांवाच्या मास्तरान ताचें नांव सकपाळाचें आंबेडकर केलें. आंबेडकाराचें माध्यमीक आनी विश्वविद्यालयीन शिकप एल्फिन्स्टन हायस्कूल आनी कॉलेजींत जालें. सन १९०७ तो मॅट्रिक पास जालो. तर सन १९१२ त तो पदवीधर जालो. हेखातीर ताका केळूस्कार गुरुजीचें मार्गदर्शन आनी बडोद्याचो सयाजीराव गायकवाड

हाचो अर्थीक पालव मोलाचो थारलो. बडोद्याच्या राजाच्या अर्थीक पालवाक लागून सन १९१३ त तो उंचेल्या सिक्षणांखातीर विदेशांत वचूंक शकलो. अमेरिकेंतल्या कोलंबिया आनी इंग्लंडांतल्या लंडन विश्वविद्यालय आनी ग्रेज – इन हांगासून ताणें एम्. ए., पी. एच. डी. (कोलंबिया), डी. एस्. सी. (लंडन), बार अॅट लॉ (लंडन) ह्यो पदव्यो जोडल्यो. अर्थशास्त्र, मानववंशशास्त्र, कायदेशास्त्र, दर्शनशास्त्र, धर्मशास्त्र, तर्कशास्त्र आनी समाजशास्त्र हाचें गिन्यान त्यावरवीं ताणें जोडलें.

भारतांत परत येतकच ताणें बडोदे संस्थानाची नोकरी केली. थंय ताका 'अस्पृश्य' म्हूण वायट अणभव आयलो. अस्पृश्य म्हूण खिणाखिणाक आयिल्ल्या वायट अणभवाक लागून अस्पृश्यां भितर जागृताय हाडपाचो वावर करपाचें ताणें थारायलें. ३१ जानेवारी १९२० दिसा ताणें 'मूकनायक' नांवाचे पंद्रशी नेमाळें काडलें. तशेंच त्याच वर्सा कोल्हापूर संस्थानांतल्या अस्पृश्यांची परिशद माणगांव हांगा घेतली. सन १९२४ त ताणें 'बहिष्कृत हितकारिणी' हे संस्थेची थापणूक केली. सन १९२६ त सातारा जिल्ल्यांत रहिमतपूरांत भरिल्ल्या महार परिशदेंत ताणें आपल्या अस्पृश्य भावांक वतनदारीं आनी गांवकीचे हक्क सोडून दिवपाक सांगलें. २५ डिसेंबर १९२७ त महाराष्ट्रांत 'महाड' हांगा थंयच्या तळ्यांत अस्पृश्यांक हेर जातींवरी उदक भरपाक मेळचें म्हूण आपल्या हजारांनी वांगड्यांसयत सत्याग्रह केलो. त्यावेळार अस्पृश्यतायेचो पुरस्कार करपी 'मनुस्मृती' ताणें जळयली. भारतांतलीं देवळां अस्पृश्यांखातीर उक्तीं जावचीं अशें ताका दिसतालें. नाशिकच्या काळाराम मंदिरांत प्रवेश करपाचो सत्याग्रह २ मार्च १९३० दिसा ताणें सुरू केलो. तो सन १९३५ मेरेन पांच वर्सा चालू उल्लो. इतले मजगतीं अस्पृश्यांचे हेडगे रानवट जमातीचे तशेंच दलीत समाजाचे प्रस्न संवसारामुखार येवचे म्हूण ताणें खासा यत्न केलो. लंडनांत भरिल्ले गोलमेज परिशदेंत आपली बाजू मांडून हिंदू संस्कृतायेन तांचे पिळगेक न्हयकारिल्ले अधिकार परते मेळोवन दिवपाक म्हत्वाचो वावर केलो. दलितांचे प्रस्न लोकांमुखार मांडपाखातीर 'बहिष्कृतभारत', 'जनता,' 'समता' सारक्या खबरांपत्रांतल्यान सातत्यान बरप केलें. २४ सप्टेंबर १९३२ दिसा गांधी–आंबेडकार हांच्यामदीं 'पुणे कबलात' जाली. तातूंत राखीव जाग्यांचो आंकडो थारावपाखातीर पांच वर्सांनी 'जननिर्देश' घेवचो अशें थारलें.

सन १९३६ त ताणें स्वतंत्र मजूर पक्षाची थापणूक केली. सन १९३७ त विधानसभेचो वांगडी म्हूण तो वेंचून आयलो. सन १९३७ त संघराज्या पद्धत आनी दारूबंदी धोरण हाका ताणें खर निशेद परगटायलो. सन १९४२ त 'ऑल इंडिया शेड्यूल्ड कास्टस फेडरेशनाची' ताणें थापणूक केली. सन १९४२ ते १९४६ मेरेन व्हाईसरॉयच्या कार्यकारी मंडळांत तो कामगार फुडारी आसलो. ह्याच काळांत ताणें 'पीपल्स एज्युकेशन' सोसायटीचीं थापणूक केली आनी 'मुंबई सिद्धार्थ महाविद्यालय' सुरू केलें. सन १९४६ त बंगाल प्रांतांतल्यान संविधान सभेचेर वांगडी म्हूण तो वेंचून आयलो. २९ ऑगस्ट १९४७ वर्सा स्वतंत्र भारताचे घटना समितिचो अध्यक्ष म्हूण ताची वेंचणूक जाली.

हिंदू बायलांचे सर्वांगीण भलायकेखातीर ताणें मांडिल्ल्या 'हिंदू कोड बिलाक' कर्मठवाद्यांकडल्यान विरोध जालो. हें बिल लोक सभेंतल्यान भायर पडटकच, नेहरूच्या मंत्रीमंडळांतल्यान कायदेमंत्री पदाचो राजिनामो दिवन तो भायर सरलो. आनी परतून १९५२ त राज्यसभेचेर वेंचून आयलो. लोकसभेची वेंचणूक ताणें दोन फावट लडयली. पूण दोनूय फावट ताका हार खावची पडली.

हिंदू धर्मांतल्या चातुर्वर्ण्य वेवस्थेक विटून १४ ऑक्टोबर १९५६ दिसा नागपूर हांगा समता, भावपण, न्याय, स्वतंत्रताय, प्रज्ञा, करुणा, शील हांची शिकवण समस्त संवसाराक दिवपी बौद्ध धर्माची दिक्षा ताणें आपल्या सुमार पांच लाख अनुयायांसयत घेतली.

आंबेडकारांक वाचनाचो खूब नाद आसलो. ताच्या ग्रंथालयांत २५,००० दुर्मीळ पुस्तकां आसलीं. ताच्या गाजिल्ल्या पुस्तकांमदीं 'द इव्होल्युशन ऑफ प्रोव्हिन्शिअल फायनान्स इन ब्रिटीश इंडिया' (१९२४), 'द प्रॉब्लेम ऑफ द रुपी' (१९४६), 'व्हॉट कॉंग्रेस अँड गांधी हॅव डन टू द अनूटचेबल्स' (१९४५), 'हू वेअर द शूद्राज?' (१९४६), 'द अनूटचेबल्स' (१९४८) 'बुद्ध अँड हिज धम्म' (१९५७), 'ॲनायूहिलेशन ऑफ कास्ट्स (१९३७)' ह्या पुस्तकांचो आस्पाव जाता. राजकी विशयांवेल्या ग्रंथांमदीं 'थॉट्स ऑन पाकिस्तान' (१९४१), 'रानडे गांधी अँड जिना' (१९४३), 'थॉट्स ऑन लिंग्विस्टिक स्टेट्स' (१९५५) हाचो आस्पाव जाता. मराठी भाशेंत ताणें खूब थोडें बरप केलें. हें बरप चडशें खबरांपत्रांतल्यान उजवाडाक आयलां.

१९९० वर्सा भारत सरकारान ताका मरणोत्तर 'भारतरत्न' पुरस्कार दिलो. १४ एप्रील १९९० दिसा ताचे घरकान्नीकडेन राष्ट्रपतीन हो पुस्करा सुपूर्द केलो. १९९० वर्सा भारत सरकारान बाबासाहेब आंबेडकराचें 'जल्म शताब्दी वर्स' म्हूण मनयले.

– सं. मं.

आंबो : (मराठी – आंबा, हिंदी – आम, गुजराती – आम्री, कन्नड – मावु, रसालमर, मल्याळम – माव, मांगे, तमिळ – मामर, संस्कृत – चूत, इंग्लीश – मँन्गो, शास्त्रीय नांव – मँन्जीफरा इंडिकां , कूळ – ॲनाकार्डिएसी)

आंब्याचें झाड सुमार १०–१५ मिटर उंच वाडटा आनी सदांच पाचवेचार उरता. झाडाची साल काळसर आनी खडबडीत आसता. सालीक बारीक चिरो आसता. झाडाची मुळां सोटमूळ पद्धतिची आसता, आनी तीं जमनींत खूप खोल वतात. पानां ५–१२ इंच लांब आनी १–३ इंच रुंदायेची आसता. पानांचो

आकार भाल्यावरीं आसता. झाडाक जानेवारी फेब्रुवारी म्हयन्यांत सरासरी १००० ते ६००० फुलां येतात. फुलांचे प्रमाण झाडाचो आकार, वय आनी जातिचेर आदारून आसता. कोंकणींत फुलांक 'चवरां' अशें म्हणटात.

भारतांत सुमार ९ लाख हेक्टर सुवातीत आंब्याची लागवड आसा. उत्तर प्रदेश, महाराष्ट्र, बिहार, आंद्र प्रदेश, बंगाल, केरळ, गुजरात ह्या राज्यांनीं आंब्याची लागवड मोठ्या प्रमाणांत जाता. भारताभायर थायलंड, मलाया, इंडोनेशिया, ऑस्ट्रेलिया, फीलीपाईन्स, वेस्ट इंडीज, फ्लोरीडा, कॅलिफोरनिया, मादागासकार, इस्रायल ह्या देशांनी आंब्याची लांगवड मोठ्या प्रमाणांत जाता. गोंयांत सुमार ४००० हेक्टर सुवातींत आब्यांची लागवड आसा. चडशीं लागवड, पोरसां, भाटां, तशेंच कुळागरांनी केल्ली दिसता.

आंब्याचे मूळस्थान खंयचें हाचेर मतभेद आसात. चडश्या शास्त्रज्ञाच्या मताप्रमाण, भारत हेंच आंब्याचे उगमस्थान आसा. आनी म्हणून आंब्याचें शास्त्रीय नांव 'मॅन्जीफरा इंडिका' अशें पडलें. हातुंतलें 'इंडिका' हें उतर भारताक संबोधन आसा. खूप पयलींसावन भारतांत आंब्याची लागवड आसा म्हणपाचे पुरावे रामायण, महाभारत पाणीनी – अष्टाध्यायी, पतंजली महाभाश्य, चरक संहिता, सुश्रुतसंहितां, कौटिल्य– अर्थशास्त्र अशा ग्रंथांनी मेळटा.

आंब्याच्यो जाती : भारतांत आंब्याचो सुमार १५० जाती आसात. इतके प्रकार आशिल्लें आंबो

हें एकमेव फळ आसुंये. उत्तर भारतांतल्या चडशा आंब्याचीं नांवां हीं फळांचो आकार, रंग आनी रुचीवयल्यान पडल्यात. देखीक खरबूज (चिबडाचे रुचिचो), तोतापुरी (किराचे चोंचीसारको), बंका (पिळदार) सुवर्णरेखा (सोनेरी रंगाचो)दक्षीण भारतांत, विशेश करून गोंय धरून कोंकण प्रदेशांत, आंब्याचें पयलें कलम करपी मनशाच्या नांवावयल्यान त्या त्या आंब्याक नांव पडलां. देखीक हापूस - आफोंस (आफोंस - आडनांव), शावियेर (झेवीयर आडनांव), कुलास (कुलासु आडनांव), फुर्ताद (फुर्ताद आडनांव).

गोंय धरून कोंकणांत मेळपी आंब्याच्यो जाती : १) अनस २) ॲक्कारोझिया, ३) ॲक्नो मालगेश, ५) आफोंस (हापूस), ६) आराऊझो, ७) ॲलिव्हिएरा, ८) करेल, ९) कुलास, १०) कोटा, ११) कोयतो, १२) कोस्ता, १३) खाप्री, १४) गाडगो, १५) चिमूट, १६) जुझे, १७) जेजुईत, १८) जेरोनिमो, १९) झेवियर, २०) तालिपाना, २१) तिमोझ, २२) तोकियो, २३) तोरांज, २४) दौरादो, २५) पायरी, २६) फर्नान्दीत, २७) फुर्ताद २८) बाबयो, २९) बार्रेटो, ३०) बिशप, ३१) बेंकोराद, ३२) भिरंडो, ३३) मदाम, ३४) मलगोवा, ३५) मांगिलाल, ३६) मांचेरो, ३७) माटकी, ३८) मानकुराद (माणकूर), ३९) मालगेद, ४०) मुसराद, ४१) रिबेलो, ४२) रोझा, ४३) रोटो, ४४) सारवरी (साखरांबो), ४५) सालगाद, ४६) सालगादीन, ४७) सेक्रेतीन, ४८) सेव्हेरीना, ४९) हुडगो.

कोंकणांतल्यो लोकप्रिय आंब्याच्यो जाती :

हापूस : 'आपोंस' ह्या पुर्तुगीज आडनांवांवयल्यान हें नांव पडलां, आसूं येता. महाराष्ट्र (कोंकण), कर्नाटक, आंध्रप्रदेश, केरळ आनी तामिळनाडूंत हे जातीचे आंबे जाता. मध्यम आकाराचें, तांतया आकृती, घट्ट, रोसान भरिल्लो, हळडुवो गर आनी हळडुव्या कातीचें हें फळ हेर आंब्याचे तुळेन चड दीस टिकता. ताचें हें टिकाऊपण ताची प्रदेशाभायर निर्यात करपाक फायदेशीर थारता. रुच, वास, रंग, आकार आनी टिकाऊपण अशीं चारय आंगां एकठांय आशिल्लो हो आंबो. हाचें पिकय व्हड प्रमाणांत येता. कोंकणांतल्या रत्नागिरी भागांतलो, विशेश करून देवगड वाठारांतलो हापूस जगप्रसिद्ध आसा. हवामानानुसार पिकाचो हंगाम थारता. कोंकणांत जानेवारी, तर हेरकडेन एप्रील - जून मेरेन पिकाचो मोसम आसता.

मानकुराद : (माणकूर) गोंयांत जावपी आंब्याच्या जातिंतली एक उच्च दर्जाची जात. मूळ पुर्तुगीज नांव 'मालकोराद' (वायट रंगाचो) हाचेंवेल्यान 'मानकुराद', 'माणकूर' अशें नामकरण जालां आसूं येता. पूण ह्या आंब्याचो रंग तसो वायट नासता. म्हणून हें नांव दिवपा फाटलो उद्देश स्पश्ट जायना. कांय जाणांच्या मतान पुर्तुगीज 'मॅांगकुराद' म्हणजे 'मँगो क्यु अर्ड' (सुधारीत आंबो) हाचेवेल्यान हें नांव पडलां आसूं येता. ह्या झाडाचो घेर व्हड आनी घुमटा आकाराचो आसा. सपाट तळ आनी गुळगुळीत गोलाकार आकाराच्या ह्या फळाचो रंग नारिंगी - हळडुवो आसता. रुचीक गोड, वासाळ असो हो आंबो पिकतकीर चड दीस तगना आशिल्ल्यान तो निर्यातिखातीर वचना. गोंय, वेंगुर्ले, मालवण आनी आशिकुशिच्या वाठारांत मार्च- एप्रील म्हयन्यांत ताचो मोसम आसता.

कुलास : गोड रुच आशिल्लो हो कुलास आंबो गोंयांत लोकप्रिय आसा. मध्यम ते मोठ्या आकाराचे आंबे ह्या झाडाक लागतात. कुलास आंब्यांचें वजन

सुमार ३४५ ग्रॅ, सुमार ११.५५ सेंमी लांबाय जाल्यार ७.६ सेंमी रुंदाय आसता. ह्या आंब्यांची साल मोव आनी गुळगुळीत आसता. हाचो गर हळडुव्या रंगाचो वासाळ आनी रुचीक आसता. झाडाच्या खोडाक तशेंच फळाकय किडी लागपाची शक्यताय चड आसता. मे सोपल्यार ते जून मेरेन ह्या आंब्यांच्या मोसमाक सुरवात जाता.



कुलास आंब्याचे दोन प्रकार पळोवंक मेळटा. काळो कुलास आनी धवो कुलास.

काळो कुलास ह्या झाडाक लागपी आंब्यांचो रंग गाड ऑलिव्ह पाचवो आशिल्ल्यान तो मात्सो काळपट दिसता. हो आंबो पिकले उपरांत काळोच दिसता. आनी म्हणून ताका 'काळो कुलास' अशें म्हणटात. दक्षिण गोंयांत काणकोण तालुक्यांत गाल्जिबाग आनी तळपणां सारक्या गांवांनी ह्या झाडाची लागवड जाल्ली पळोवंक मेळटा. हे आंबे आकारान मध्यम आनी रूचीन गोड आसतात. चडकरून ह्या आंब्याच्या गरांत तंतू आसनात. हे आंबे कांय काळ मेरेन तिगतात. वर्सानवर्स ह्या झाडाक आंबे लागतात. जून ते जुलै मेरेन ह्या आंब्यांचो मोसम आसता.

चडकरून दक्षिण गोंयच्या काणकोण तालुक्यांत धव्या कुलासाचें झाड सापडटा. ह्या झाडाक लागपी आंबे कापून खावपाखातीर वापरतात. ह्या आंब्यांचो आकार मध्यम आनी मोठो. तांचे वजन ३१३ ग्रॅ. लांबी १२ सेंमी. जाल्यार रुंदी ७ सेंमी. ह्या आंब्यांची साल मोव, गुळगुळीत, नारिंगी वा हळडुव्या रंगाची आसता. हाची साल कोडू आसनात, ती गोड आसता. हाची साल चिवट, पातळ आशिल्लयान ती सोलपाकूय सोंपी. ह्या झाडाच्या खोडाक किडी, फुलकिडी, फळांचेर बसपी किमसां अशो किडी लागपाची शक्यताय आसता. हें आंबे कांय काळ मेरेन तिगतात. मे सोपल्यार ते जून मेरेन ह्या आंब्याच्यो मोसमाक सुरवात जाता.

मांगिलाल : ही आंब्याची जात उत्तर गोंयांत पळोवंक मेळटा. फळांचो आकार, रसाचो रंग, रूच आनी रसाचे प्रमाण हातूंत बरीच विविधताय आसता. ह्या आंब्यांचें वजन सुमार २८७ ग्रॅ, लांबी ९.४५ सेंमी आनी रुंदी ७.० सेंमी आसता. हाची साल गुळगुळीत, हळडुवी - नारिंगी, ताचेर गुलाबी रंगाच्यो रेगो, चिवट, तशेंच साली सोलताना सोंपेपणान सोलतात. हे आंबे रूचीन गोड तशेंच बरोच काळ तिगता. ह्या आंब्यांक किमसां बसतात, तशेंच ह्या झाडाच्या खोडाकूय किडी लागतात. मे ते जून मेरेन हे आंब्यांच्या मोसमाक सुरवात जाता.

फर्नान्दिन : ही एक आंब्याची जात. जशें हें झाड वाडटा तशें तें घुमटाचो आकार घेता (घुमटाकार). ह्या झाडाक आंबे लागपाक बरोच काळ लागता. ह्या झाडाक लागपी आंबे मध्यम ते मोठे, लांबट, गोल आनी तेंगशेर लागता. ह्या आंब्याचें वजन सुमार ३६९ ग्रॅ, लांबी १०.९५ सेंमी. आनी रुंदी ८ सेंमी. ह्या

आंब्याची साल जाड, मोव आनी हळडुव्या रंगाची. हे आंबे रूचीन गोड. हे आंबे बरोच काळ तिगतात. मे सोपल्यार ते जून मेरेन ह्या आंब्याच्या मोसमाक सुरवात जाता.

मुसराद (बार्देस) : ह्या आंब्यांची जात गोंयांत बार्देस तालुक्यांत पळोवंक मेळटा. तांबड्या रंगाचे आंबे ह्या झाडाक लागिल्ल्यान तें झाड पळोवंक खूब सुंदर दिसता. ह्या झाडाची वाड बरी जाता. ह्या झाडाक मध्यम ते मोठ्या आकाराचे आंबे लागतात. तांचे वजन ३६५ ग्रॅ. तांची १०.५८ सेंमी लांबी आनी ८.२५ सेंमी. रुंदी आसता. ह्या आंब्यांची साल गुळगुळीत आनी रंगान गाड नारिंगी. हे आंबे चड काळ मेरेन तिगता. मे सोपल्यार ते जून मेरेन ह्या आंब्यांच्या मोसमाक सुरवात जाता.

मुसराद (सालसेत) : ह्या आंब्यांची जात गोंयांत सालसेत तालुक्यांत पळोवंक मेळटा. मोठे ते मध्यम आकाराचे आंबे ह्या मुसराद (सालसेत) आंब्याक लागता. तांचे वजन ३६८ ग्रॅ., तांची ११.२५ सेंमी. लांबी, जाल्यार ८.५५ सेंमी तांची रुंदी आसता. हाची साल खरखरीत, हळडुव्या नारंगी रंगाची तिचेर तांबड्यो रेगो आसतात. हो आंबो रूचीन गोड. ह्या झाडाच्या खोडाक किडी लागतात. हॉपर्स आनी फळांचेर बसपी किमसांचोय त्रास जाता. मुसराद आंब्यांपासून जॅम, जेली, लोणचें आनी हालवो तयार करतात. हे आंबे चड काळ मेरेन तिगतात. तांचो मोसम मे सोपल्यार ते जून मेरेन सुरू जाता.

झेवियर : ह्या आंब्याचो प्रकार पुराय गोंयांत सापडटा. हातूंत तंतू आशिल्ले आनी तंतू नाशिल्ले अशे दोन जाती आसता. तंतू नाशिल्ल्या प्रकाराची चड प्रमाणांत लागवड जावपाची शक्यताय आसता. हे

आंब्याचें बोन्साय झाड

आंबे कापून खावपाखातीर वापरतात. ह्या आंब्यांचो आकार मध्यम ते बारीक आसता. तांचे वजन २६६ ग्रॅ., ९.६६ सेंमी लांबाय जाल्यार ७.३५ सेंमी रुंदाय आसता. भायल्यांतल्यान ताची साल, गुळगुळीत आनी नारिंगी रंगाची आसता. हे आंबे रूचीन गोड. चड काळमेरेन हे आंबे तिगनात. ते रोकडेच कुसतात. ह्या झाडाचे खोडाक, फळांक किडी लागपाची शक्यताय आसता. दर वर्सा हें झाड आंबे दिता. मे सोपल्यार ते जून मेरेन ह्या आंब्यांच्या मोसमाक सुरवात जाता.

लागवड : आंब्याचे लागवडीक मध्यम प्रतिची बरो निचरो जाता तसली आनी कांय प्रमाणांत आमसाणिचे (आम्ल) जमिनींत हे पीक बरें जाता. ह्या पिकाक उशण आनी दमट हवामान मानवता.

आंब्याची लागवड काथे (पारे/पारयो/पारी) रोंवन तशेंच कलमां करून करता. काथ्यापासून लागवड केल्यार बऱ्या जातिची फळां मेळना, तशेंच हीं झाडां उसरां उत्पन्न दिता. तेखातीर बऱ्या जातिचीं फळां जाय जाल्यार कलमांपासून लागवड करतात. कलमां करपाच्यो बऱ्योचशो पद्धती आसात. पयलींच्या तेंपार भेट कलम, बगल कलम, छाट कलम, गुटी कलम खुटी कलम अशो कलमांच्यो पद्धती आपणायताले. ह्यो पद्धती आतां फाटी पडल्यात, आनी सध्या भेट कलम, तशे मृदुकाष्ट कलम ह्यो पद्धती वापरांत आयल्यात. भारतांत कलम पद्दत प्राचीन काळासावन वापरातांत आसली, तरी आधुनीक काळांत कलम तंत्र पुर्तुगिजांनी गोंयांत १७१० त हाडलें.

आंब्याचे लागवडिखातीर १X१X१ मिटर लांब रुंद आनी खोल अशे फोंड मारतात. जर जमीन तळपाची आसत जाल्यार २X२X२ मिटर लांब, रुंद आनी खोल अशे फोंड मारतात. मासाळ जमनीक १ मिटरचो फोंड पुरो जाता. ह्या फोंडांत मागीर १ किलो स्टेरामील (हाडाची पूड), १ किलो मसुरी फोस्फेट, १ किलो कडू निमाची पेण आनी २० किलो कंपोस्ट जावं बरें कुशिल्लें शेणसारें घालतात. अशे तरेन उरिल्ली माती घालून फोंड भरून घेतात. फोंडाच्या मदीं कलम लायतात. कलम लायतना ताचो जोड जमनीपासून चार इंच वयर दवरतात. कलम लावन जातकच एक बडी लावन ताका आधार दितात. कलमाच्या मुळांत पालो घालतात. कलमाची लागवड १०X१० मिटर अंतराचेर करतात.

कलमांक पयलीं दोन वर्सा उदक दितात.

आंब्यांच्या झाडांक सारें घातल्यार झाडां उत्पन्न बरें दिता. आंब्यांच्या १० वर्सा पिरायेच्या झाडांक

१५०० ग्रॅम नत्र, ५०० ग्रॅम स्फूरद तशेंच ५०० ग्रॅम पोटेश इतल्या अन्नद्रव्याची गरज आसता. ही अन्नद्रव्यां रासायनीक वा सेंद्रीय साऱ्याच्या रुपान दिवपाक जाता. सेन्द्रीय साऱ्याच्या रुपान दिल्यार झाडां चड सशक्त जाता. हालितेंपार बरेचशे शेतकार, गायंडोळ सारें, शेणसारें, पालो, ह्यासारख्या सेन्द्रीय साऱ्यांचो वापर करतात. रासायनीक सारें दितना झाडाक पयलीं आळें काडटात. हीं आळीं ऑगस्ट म्हयन्यांत काडून तातूंत पयलीं सारें घालून मागीर तीं पुरयतात.

कलम लायल्याउपरांत, पयलीं दोन वर्सां, कलमाच्या जोडा सकयल्यान जें फागूर येतात तें काडून उडयतात. हे फागुर काडले ना जाल्यार, घोटांचे आंबे जातात, कारण हीं कलमां करपाखातीर खंयच्याय जातिच्या काथ्याचो वापर केल्लो आसता. कलम लायल्या उपरांत जायते फावट पयल्याच वर्सा कलमाक चवरां येता. पयलीं तीन वर्सां अशीं चवरां येतात तीं काडून उडयतात. अशे केलेंना जाल्यार, कलमाची फाव तशी वाढ जायना.

आंब्याच्या रुखाक रोग तशेंच किडिंचो बऱ्याच्र प्रमाणान उपद्रव जाता. कांय महत्वाच्यो किडी तशेच रोग आसात ते अशे.

१) कोमरी खावपी कीड : हे किडीची लागण ल्हान कलमांक तशेंच व्हड झाडाकूय जाता. झाडाक जेन्ना नवीं कोमरी येता तेन्ना ही कीड कोमरेक बुराक मारून भितर घुसता आनी कोमरेंतलो रोस चोखीत रावता. हाकालागून कोमरी सुकता. झाड वाडपाक पावना. किडिआड १५ मि. ली. येन्डोसल्फन, १० लिटर उदकान घालून फवारो मारतात.

२) तुडतुडे : ही कीड चवरांतलो तशेंच तन्न्या पानांतलो रोस पिता. हाकालागून चवरां करपतात. ह्या किडिच्या आंगांतल्यान चिकट आनी गोड पदार्थ भायर सरता, हाकालागून झाडाचेर भुरी रोगाची बुरशी वाडटा. अशेतरेन झाडाचेर तुडतुडे किडी आनी भुरी रोगाची लागण एकाच वेळार जाता. ही कीड भुरी रोगाआड १५ मि. ली. येन्डोसल्फन आनी १० ग्रॅम बाविस्टीन हें वखद १० लिटर उदकांत घालून झाडाचेर फवारो मारतात.

३) खांदयो आनी खोड पोखरपी कीड : ही कीड झाडाच्या सालिच्या खांचिनीं तांतया घालता. तांतयांतल्यान भायर आयिल्ल्यो किडी पुराय झाड पोखरून ताचो गाभो खातात. व्हडा प्रमाणांत लागण जाल्ली आसल्यार झाड रोखडेंच मरता. किडिआड क्लोरोपायरीफोस १० मिली. वखद एक लिटर उदकांत घालून हें वखद खोडाक बुराक मारून भीतर घालता. मात कीड खूप भितर गेल्ली आसत जाल्यार ह्या वखदाचो व्हडलोसो परिणाम किडीचेर जायना. ते खातीर किडिची लागण जाल्याबरोबर ह्या वखदाचो वापर करूंक जाय.

काथो पोखरपी कीड : नांवाप्रमाण ही कीड काथो पोखरता. ही कीड फळ तन्ने आसतना फळाच्या सालिचेर तांतयां घालता. तांतयांतल्यान कीड भायर आयल्याउपरांत पयलीं फळाच्या गरांत घुसता आनी मागीर काथ्यांत घुसता. हे किडिची वाढ काथ्यांत जाता. थंय वाडल्याउपरांत ही कीड भायर येता आनी फळांतलो सगळो गर इबाडटा. हे किडिआड नुवाक्रोन हें वखद २० मि. ली. १० लिटर उदकांत घालून फळां बारीक आसतना फळांचेर फवारतात.

फळमूस : ही कीड फळांचे सालीक ल्हान बुराक मारून थंय तांतयां घालता. तांतयांतल्यान किडी भायर येतकच फळांतलो गर खावपाक लागता. हाकालागून फळ कुसता. हो किडिचो प्रसार जावचो न्ही म्हूण,

पडिल्ली फळां पुंजावन ती नश्ट करतात. हे किडी आड पांजऱ्यांचो वापर करतात. पांजरो लायल्यार, ह्यो किडी पांजऱ्यांत येवन मरतात. पांजऱ्यांत युजीनोल नांवाचे रसायन वापरतात.

ह्या रोगाची लागण जाल्यार, पानांचेर तांबशा रंगाचे तिबे दिसतात. हे तिबे मोठे जावन, एकामेकामर्दी भरसतात, आनी पान करपून गळून पडटा.

बेनुल्ल : ही आंब्याचेर वाडपी परोपजिवी वनस्पत. ही वनस्पत आंब्यांच्या झाडांतल्यान रोस ओडून घेता. हाकालागून खांद्यो सुकता. बेगीन उपाय घेतलेना जाल्यार पुराय झाड मरता. बेनुल्लेची लागण जाल्यार ती बेनुल्ल पयली कोयत्यान खरवडून काडटात. उपरांत ती परत येवची न्ही म्हणून बेनुल्ल आयिल्ल्या जाग्यार डांबर लायतात.

आंब्यांचें कलमी झाड चवथ्या वर्सा सावन आंबे दिवंक लागता. कांय कलमी झाडां दुसऱ्या वा तिसऱ्या वर्सा फुलतात, पूण अशीं फुलां काडून उडयतात, कारण अशें केलेंना, तर झाडाच्या वाढिचेर ताचो परिणाम जाता. झांडाची वाढ जाय तितकी जायना. फळांचेर हळडुवसार रंग पातळूंक लागलो म्हणटकच फळां जून जावन काडपाक तयार जाली. अशें जाता. अशा वेळार आंबे देठासयत काडटात. आंबे काडपाखातीर आंब्याझाडार चडून कोबल्याच्या आदारान आंबे काडटात. काडिल्ले आंबे ओल्या आंगशान पुसतात, आनी उपरांत मुडयाक घालून पिकोवपाक दवरतात.



रसायनीक प्रक्रीयेन पिकयल्ले आंबे नश्ट करताना.

आंब्यांच्या वीस वर्सां पिरायेच्या एका झाडांपासून सरासरी १००० आंबे मेळटात. आंब्याच्या कांय गांवठी जातिपासून ५००० आंबे मेळपाक शकता. आंब्याच्या फळांत अ, ब आनी क जीवन सत्वां आसता, तशेंच स्फूरद आनी कॅल्सीयम हे महत्वाचे घटक आसता.

उपेग : आंब्याचो खाणां करपाक तसो वखदी उपेग जाता. झाडाच्या लाकडाचो दर्जो उणो आशिल्ल्यान ताचो वापर जळणाखातीर वा किरकोळ वस्तू करपाखातीर जाता. लाकडाच्या उपेगापरस फळाच्या उपेगाखातीर आंब्याची लागवड जाता.

खाणां खातीर उपेग : १) खळांतलीं (दोणांतलीं), तोरां : (आंबल्यो), तोरां (तन्ने आंबे) मिठाच्या उदकांत चेपणाक दवरता. ज्या लाकडाच्या आयदनांत तीं दवरता तांकां 'दोण' म्हणतात. आनी खळांतल्या तोरांक तेखातीर दोणांतलीं तोरां' म्हणटात. खळाक तोरां घालतात ती बऱ्या गाफीच्या आंब्याची घालनात, तर तीं खुंटिच्या (घोंटाच्या) आंब्यांची घालतां. अशा आंब्यांक आंबल्यो म्हणटा आशिल्ल्यान, तांच्या खळांतल्या तोरांक 'खळांतल्यो आंबल्यो' म्हणटात. अशो खळांतल्यो आंबल्यो वर्सभर उरता आनी ताचो शिरो करून जेवणार तोंडाक लायता. कांयवेळा अशो आंबल्यो चिरून तातूंत मसालो भरून दवरतात. तांकां 'भरिल्ल्यो आंबल्यो' म्हणटात.

२) लोणचें : ताज्या तोरांच्यो फोडी करून, त्यो मसाल्यांत बुडोवन, तेलांत कालसून दवरता. चडदीस तिगचें म्हणून लोणच्याखातीर घट, कुरकुरीत गर आशिल्ल्या तोरांची निवड करता. कोंकणांत 'करेल' आंबो हो चडसो लोणच्याखातीरच वापरता. आधुनीक काळांत खास प्रक्रिया करून, बरण्यांनी भरिल्लें सील - बंद लोणचें बाजारांत उपलब्ध जाता. ताचेर केल्ले प्रक्रियेक लागून अशें लोणचें चड दीस उरता. गार्फाच्या तन्या आंब्यांच्या गराच्यो फोडी आनी गोड वा साखर घालून आंब्याचें गोड लोणचेंय करता. ताका 'मुरांबो' म्हणटात.

३) आंब्या हालवो : बऱ्या दर्जाच्या गोड फळांचो गर घेवन तातूंत साखर, वेलच्यो खिरोवन, (चुलीर तापोवन).तो बरण्यांनी भरून दवरता. ह्या मिश्रणांत सायट्रीक ॲसीड घाल्यार तें चड दीस टिकता. आंब्या हालव्याचे सील बंद डबे बाजारांत विक्रेक दवरतात.

४) आमरस : आंब्याचो गर पिळून आयिल्ल्या रोसांत साखर घालून केल्लो पदार्थ.

५) आंब्या - साट : आंबे (चडशीं घोटां) सोलून तांचो गर मुड्डून दाडसो रस काडटात. उप्रांत पानांचेर, वा कसल्या सपाट वस्तुचेर (ताट, हातरपटो) रोसाचो पातळ थर पातळावन वतांत सुकयता. सुकयल्ल्या साटाचे कुडके करून खातात.

६) पानक (पनें) : तोरांच्यो साली सोलून तोरां उदकांत उकडटात. ह्या उदकांत उकडिल्ल्या तोरांची एक आगळीच रुच येता. एप्रील - मे म्हयन्याच्या उबाळ्याच्या दिसांनी हें पेय घेतल्यार कुडीक थंडसाण मेळटा.

७) आंब्यां - सासंव : पिके आंबे सोलून, मसाल्यांत बुडोवन शिजयता आनी ताका तेलांतल्यान सांसवांचें फोण्ण दिता. हें खाण रुचीक आंबड - गोड आसता.

८) आमसोलां : जून तोरांच्यो काती आनी पारे (कोयो) काडून, उरिल्ल्या गराच्यो लांबशो शिरो करून, तांकां मिठाचें उदक लावन सुकयतात. सुकयल्ल्या शिरांक 'आम-सोलां' म्हणटात आनी तीं हुमणाक वा सुक्याक वापरता.

९) उकडे – आंबे : आंबे तशो आंबल्यो कातीसयत उदकांत उकडटात आनी उकडिल्ले आंबे साली काडून खातात. उकडितल्यान आंब्याची आंबसाण उणी जावन आंबे खावपाक रुचीक लागता. अशें उकडिल्लें आंबे खळांतय घालतात.

१०) तेभायर, चॉकलेटी, आईस्क्रीम, शॅक, केक, बर्फी, जेली, शितपेय सारख्या पदार्थांतय आंब्याचो वापर जाता.

वखदी – उपेग : गळो दुखल्यार वा खेळण्यो आयल्यार आंब्या–पानां जळून ताची धुंवरी घेता. पातळ परसा कडेन जालें तर सुकिल्लीं चवरांचो उपेग वखद म्हणून करता.

हेर उपेग : आंब्या सालिचो उपेग रंग तयार करपाक जाता. आंब्याची पारय (कोय) कांय लोक खातात. तशेंच तें गोरवांची खावड म्हणूनय वापरतात. आदल्या काळार, आंब्याचीं जितीं पानां लोक दांत घांसपाखातीर वापरताले. गुरवार बायलेक तोर खावपाचे दुवाळे जाता तेन्ना तिका तें खावंक दिता.

सांस्कृतीक संदर्भ : आंब्या – रुख मंगलकारी मानतात. हिंदू धर्मांत भोवतेक धार्मीक कार्याविळार आंब्या पानांचें तोरण दारार बांदपाची प्रथा आसा. धार्मीक विधिंनी मंगल कलशाचेर आंब्यापानां दवरून ताचेर नाल्ल दवरतात. धार्मीक कार्याचो माटोव घालूक सुरवात करताना आंब्या – ताळो बादून सुरू करपाची चाल आसा. आंबो हें नवनिर्मितिचें प्रतीक मानता आनी वांझ बायलेक गुरवारपण येवचे खातीर आंब्यारुखा पुजा करपाक आनी आंब्या फळ खावपाक दिता.

–श्री. विश्राम गांवकार

– सं. मं.

आंब्या रसायन (आमरस) : आमरस : आंब्याच्या रसापासून तयार केल्लो गोड पदार्थ

लागपी जिन्नस : ८ आंबे, ११/२ कप दूध, १ वाटी साखर (गोडसाण जाय तितली), १ व्हडलो चमचो वेलचिचो पिठो, रुचीक धाकटो अर्द चमचो मीठ. (८ लोकांखातीर)

तयार करपाची पद्धत – आंब्याच्यो काती काथो काडून गर काडपाचो. हो गर मिक्सराचेर वांटून वा रवीन धवळून तें एकजीव करचें तातूंत दूद घातल्यार आमरस चड रुचीक लागता. गोडसाण जाय तितकी साखर आनी वेलचिचो पिठो घालप.

आमरस हें खाण मुखशुद्धीक खावप जाता. हाका पकवानय म्हण्टात. लग्नाक जावं धार्मीक कार्यावळीक हो खाशेलो जिन्नस करप जाता. गोंयांत वर्साक ३–४ म्हयने आंबे मेळटात. मार्च ते जून मेरेन मानकुराद, मुसराद, पायरी, आफोंस ह्या तरेक तरां आंब्याचे रस काडून गोंयकार आमरस करतात.

– श्रीमती सुधा सुरेश आमोणकार

आंब्याचें लोणचें (तीख) : साहित्य : ५ करेल आंबे, १ वाटी मिरसांगाचो पिठो, १ धाकली वाटी सांसवां, १० मिरयां, १ व्हडली वाटीभर मीठ, १ व्हडलें कुलेर हळडिचो पिठो, १० ग्राम हींग, चिमटीभर मेथयो, १/२ वाटी तेल.

रीत : १ चमचोभर तेल तव्यार तापत दवरचें. तेल तापल्या उपरांत तातूंत हींग, मिरयां आनी मेथयो फुलोवच्यो. मागीर तातूंत हळडिचो पिठो उडोवचो आनी उज्यावेलो सकयल काडचो.

मेथयो, मिरयां, हींग हे तिनूय नग सुकें वांटून

घेवचें. तशेंच मिठूय सुकेंच वांटून घेवचें. तापत दवरिल्लें तेल न्हिवतकच तातूंत शिनिल्ल्यो आंब्याच्यो फोडी ओतच्यो, आनी बरें चाळून हें लोणचें बरणेंत भरून दवरचें.

– सं. मं.

आंबल्यांचें लोणचें (गोड) : साहित्य : २ वाट्यो करेल आंब्यांच्यो फोडी, ४ वाट्यो गॉड, १० हरव्यो मिरसांगो, शंकर छाप हींग, १ चमचो सांसवां, १ चमचो मिरसांगा पिठो, रूचिपुरतें मीठ

रीत : करेल आंबे नाजाल्यार तरणे पाचवीं साल आशिल्ले कसलेय आंबे तासून घेवन, तांच्यो अर्द्यो इंचाच्यो फोडी करच्यो. गॉड किसोवन (तासून) घेवचें. मिरसांगो उब्यो चिरून तांचे कुडके करचे. एक आयदन तापत दवरचें. तातूंत सांसवां सुकींच फुरफुरावन पिठो करून दवरचीं. एका व्हडल्या आयदनांत तेल तापत दवरचें. तेल तापले उपरांत तातूंत मिरसांगाचे कुडके घालून तळसुचें. हींग धोडावन घालचो आनी परतुचो. ही फुलतकच उदक, गॉड, मीठ, सांसवांचो पिठो घालचो आनी बरें शिजोवचें.

गॉड खिरतकच आंब्याच्यो फोडी घालून बऱ्यो शिजोवच्यो. सुक्या मिरसांगांचो पिठो (तिखट) जाय जाल्यार घालचो. शिजयतना धापणें धापिना जाल्यार जाता. आंब्याचे कुडके धवें दिसतात जाल्यार आनीक थोडें उदक घाल्यार जाता. दाटशेंच जातकच सकयल काडचें. लोणचें थंड जातकच दब्यांत घालून दवरचें.

तिखट चड जाय जाल्यार हरव्यो मिरसांगो चड घालच्यो. नाजाल्यार सुक्या मिरसांगांचो पिठो घालचो. आंबल्यांच्यो फोडी करतकच थोडें मीठ लावन दवरतकच अर्द वरान फोडी वातड जातात. आवडटा जाल्यार तशेंय करचें.

– सं. मं.

आंब्या साट (आंब्या पोळी) : पळयात : आंबो (आंब्या–साट)

आंब्याचे (घोटां) सांसव : रीत : विसेक आंबे (घोटां) धुवून सोलचे आनी तांचो पिळून बरो रोस काडून घेवचो आनी कुशीक दवरचो. पिळून रोस काडिनासतानाय सोलिल्लीं घोटां जशाक तशीं वापरतात.

सुमार पन्नास ग्राम सांसवां सुकीं भाजून घेवचीं. सोलून, रोस काडून दवरिल्ली घोटां शिजोवची आनी न्हिवत दवरचीं. एका नाल्लाची सोय, धायेक सुक्यो मिरसांगो, थोडीं मिरयां वांटून घेवचीं. शेवटाक तातूंत सांसवांय मातशीं, मोटिशींच वांटची. शिजयिल्ले आंबे (घोटां) न्हिवतकच तातूंत हें सगळें वांटप घालचें. दवल्यान सगळे आंबे मुड्डुचें. रूच पळोवन गॉड आनी मीठ घालचे. बरेतरेन चाळून हें सांसव एकजीण करचें.

– सं. मं.

आंब्याचें आंबट : (सांसव) (केरळी पद्धत)

साहित्य : बरे पिकिल्ले आंबे (सुमार १ कील), गॉड (७५० ग्राम), चण्या दाळ (२५० ग्राम), १ नाल्ल, काजू बियों (२५ ग्राम), सांसवां, जिरें, करबील, मीठ, सुक्यो मिरसांगो (४)

रीत : आंबे धुवून तासून घेवचे. चण्यादाळ बरी शिजली की तातूंत आंबे, काजुबियों घालचे. सुक्यो मिरसांगो आनी नाल्लाची सोय वांटून घेवची आंबे शिजून जातकीर तातूंत गॉड धाडावन घालचें आनी चाळीत रावचें. गॉड विरल्याउप्रांत मिरसांगो आनी सोयेचो मसालो घालून ताका खतखतो काडचो. सांसवां, जिरें आनी करबिलाचें फोण्ण दिवन थोड्या वेळाभितर आयदन रांदणीवयल्यान सकयल देंवोवचें. आंबे मोटे आसल्यार ताच्यो कापी करून घातल्यार शिजपाक बऱ्यो पडटा. आंब्या आंबट चड पातळ वा चड दाट जावंक दिवंचें न्ही. लग्न, मूज, आनी हेर उत्सवाच्या जेवणांत, आंब्याच्या मोसमांत, हें खाण करतात.

– सुशिला टी. भट्ट

आंब्या सोलां : पळयात : आंबो (आमसोलां)

आंब्याचो हालवो : साहित्य : मध्यम आकाराचे १२ मोसराद आंबे, १ कील साकर, १०–१२ वेळच्यो.

रीत : आंबे बरेच पिकतकच तांचो रोस काडचो. परत एकदां हातानीं आंबे पिळून मदीं सुतां आसल्यार तीं काडून उडोवचीं.

दाटशाच मुळाच्या आयदनांत हो रोस घालून गॅसार मंद उज्यार दवरून धवळीत रावचो. हो रोस सुकत येतकच दाटसोच गुळो कसो जाता. दाटसोच गुळो जातकच तातूंत साकर घालची. वेळचेचो पिठो करून घालचो आनी परत घोटीत रावचो. गॅसाचो उजो बारीक दवरचो. नाजाल्यार पोंदाक करपता.

रोस घट्टसोच जातकच म्हळ्यार तोपाचे कडेक साकर घटशी जाता तेन्ना हालवो जालो अशें समजुपाचें. आयदन सकयल काडून थंड जातकच दब्यांत नाजाल्यार कंवचेचे बरणेंत भरून घट्ट धांपण लावन दवरचो.

हालवो चपाते वांगडा खावपा इतलो पातळ दवरचो. चपाती, पाव हाचे वांगडा खावपाक आंब्याचो हालवो बरो जाता.

– सं. मं.

आंबोली घाट : कोंकणांतल्या सिंधुदूर्ग वाठाराक बेळगांव मार्गान कर्नाटकाक जोडपी हो घाट आसा. सिंधुदुर्गाक महाराष्ट्राच्या भितरल्या म्हणजे कोल्हापूर भागाचो संबंध हो घाट जोडून दिता. सावंतवाडिसावन ३० किलोमिटर, बेळगांवसावन ९० किलोमिटर आनी कोल्हापुरसावन १२० किलोमिटर अंतराचेर हो घाट आसा. सुमार चारेक किलोमिटराचे. लांबायेर पातळिल्ल्या आनी दर्या–सपाटीपासून सुमार २३७८ फूट उंचायेर आशिल्ल्या ह्या घाटाक व्हडप्रमाणांत पावसाच्या उदकाची पुरवण जाता. जूनपासून सुमार चार म्हयने, सतत आनी घोग्यांचो पावस आनी नेटाचो वारो हांगा आसता. तशेंच हेर काळांत हो वाठार दाट धुक्यान बुडिल्लो आसता. दर वर्सा सुमार साडेतिनशें मिलिमिटर पावासाची हांगा नोंद जाता. हाका लागून हो वाठार वनस्पत तशें मोनजात हांचे गिरेस्तकायेन भरलां. हांगा हिरण्यकेशी न्हंयचो उगम, नांगरतास घोघो, रुस्त्याकुशिचो मुखेल घोघो, महादेव गड पॉईंट, शिरगांवकर पॉईंट, हिरण्यकेशी पॉईंट, कावळेसाद पॉईंट, अशी साबार पर्यटन थळां

आसात. आंबोली – आजरा मार्गावयलो कावळेसाद पॉईंट म्हणजे दोनय वटेनी पाठार आनी मुखार सुमार साडे आठशें फूट खोल देंगण असो ओड लावणो देखाव. जोडयेक सातेक घोघे पळोवंक मेळटा. आंबोलिची भुगोलीक रचणूक, हांगचें पर्यावरणीय गिरेस्तकाय आनी सूखद हवामान नदरेमुखार दवरून ब्रिटिशांनी १८७९ च्या सुमाराक ह्या वाठाराचो पर्यटन थळ म्हूणन विकास करपाक सुरवात केली. सावंतवाडी संस्थानाचे तेन्नाचे ब्रिटीश पोलिटिकल एजंट वेस्ट्रॉप हाणें आंबोली हें हील स्टेशन करपाचें येवजिलें. पूण प्रत्यक्षांत सावंतवाडी – बेळगांव हो रस्तो आंबोली घाटांतल्यान बांदलो तेन्नाच हे येवजणेन चालना मेळूंक पावली. फुडें सावंतवाडिच्या संस्थानिकांनी, आंबोली परिसरांत, जायत्या पॉईंटसचो विकास करपाखातीर रस्ते आनी पूल बांदपाची वेवस्था केली.



सद्याक आंबोली घाट हो दोन कारणां खातीर म्हत्वाचो थारला. पयलें कारण म्हणजे गोंय धरून कोंकणप्रदेशाखातीर महाराष्ट्र आनी कर्नाटकांतल्या घाटावयल्या प्रदेशांकडेन वेपार आनी हेर संपर्क सादपी येरादारी मार्ग. आनी दुसरें कारण म्हणजे ह्या प्रदेशांतल्या पर्यटकांखातीर एक लागिचें तशें मनभुलवणे पर्यटन केंद्र. आंबोली पर्यटन केंद्राचे बाराय म्हयने पर्यटकांची गर्दी आसता. विशेश करून पावसाळी पर्यटन मोसमाचें तें एक लोकप्रीय पर्यटन

थळ म्हणून नावाजलां. पर्यटन थळाचे जोडयेकच थंयची वनस्पत आनी मोन जातिचे गिरेस्तकायेखातीर त्या त्या मळावयल्या संशोधनकांची ती संशोधनप्रयोग शाळा जाल्या.

– सं. मं.

आंसो काडप : पळयात : घाडी

आईसफ्रूट : रंगयाळें गोड सरबत घालून तयार केल्ली बर्फाची बडी. सरबताची गोडसाण आनी बर्फाची थंडसाण आशिल्लें हें मिश्रण भुरग्यांचे भोव आवडिचें खाण.

सरबत आनी उदक हांचें मिश्रण करून, थारावीक आकाराच्या साच्यांच्या खणांत दवरतात. थंय तें थारावीक तपमानाखाला दवरतकीच ताचें रुपांतर बर्फांत जाता. हो बर्फ सांच्यांत वडयेचो आकार घेता. आईसफ्रूट हातांत धरून चोखपाचो आशिल्ल्यान, साच्यांतल्या उदकांत लाकडी काडी दवरतात. उदकाचो बर्फ जातना तातूंत ही काडी घट्ट बसून रावता. आईसफ्रूट साच्यांतल्यान भायर काडटकीर तांचो बर्फ भायल्या तपमानांत विरगळचो न्ही म्हणून त्यो व्हडल्या आकाराच्या थर्मासांत दवरतात.

आदल्या तेंपार आईसफ्रूट विकपी आईसफ्रूटकार, सायकलीक थर्मास बांदून गांवांगांवांनी भोवून आईसफ्रूट विकताले. शाळेच्या मध्यंतरांत भुरगीं शाळे भायर अश्या आईसफ्रुटकारा भोंवतणी जमून एकतरी आईसफ्रूट घेतले बगर रावनासलीं. त्या काळांत शाळकरी भुरग्याचें आईसफ्रूट हें आवडिचें खाण आसलें.

आईसफ्रुटांत वापरता तें सरबत आनी त्या सरबताचो रंग हो कांय वेळा हलक्या प्रतिचो वापरिल्ल्यान तो भुरग्यांचे भलायके क हानिकारक जातालो. ह्या कारणाक लागून आनी हाली तेपार उपलब्ध आशिल्ल्या हेरतरेच्या खाणांक लागून आईसफ्रूट निर्मिती खुपूच उणी



जाल्या.

आईसफ्रुटा सारकींच कुल्पी आनी सरबतांत बुडयल्ले बर्फागुळे हीं बर्फाचीं खाणांय आतां उणीं जावंन तांची सुवात आईस्क्रीम कपां, आईस्क्रीम बार, आईस्क्रीम कोन सारकिल्या बर्फ आनी दूद घालून केल्ल्या खाणांनी घेतल्या.

– सं. मं.

आकाशवाणी : भारत सरकाराचे रेडिओ कार्यावळी वितरावपी प्रसार यंत्रणेक 'आकाशवाणी' आनी 'ऑल इंडिया रेडिओ' म्हणटात. हे यंत्रणेंत अवकाशांतल्यान वचपी ध्वनी लहरींच्या माध्यमांतल्यान आवाजाचो प्रसार जाता जाल्ल्यान

हे यंत्रणेक 'आकाशवाणी' हें नांव पडलां. ते भायर, भारतीय पुराण ग्रंथांनी अशे तरेचे ध्वनी – यंत्रणेक 'आकाशवाणी' हें नांव आदींच दिल्लें मेळिल्ल्यान हेंच नांव भारतीय संस्कृतींत जुस्ताक जुस्त बसलां.

जांणी रामायणांतल्यो आनी महाभारतांतल्यो वा हेर पुराणांतल्यो कथा आयकल्यात तांकां आकाशवाणी ह्या उतराचो त्या कथा संदर्भांतलो अर्थ खबर आसा. देखीक देवकीचो आठवो पूत तुजो नाश करतलो अशी शिटकावणी देवानी कंसाक दिल्ली. त्या शिटकावणेक भियेवन कंसान देवकीची भुरगीं मारलीं. सातवो कृश्ण. ताका वसुदेवान गोकुळांत पावयलो. आठवी आदिमाया ती मारपाक व्हेल्ली आसताना कंसाच्या हातांतल्यान निसटली आनी तिणें मळबांतल्यान आकाशवाणी वरवीं कंसाक शिटकावणी दिली. देवकीची भुरगीं मारपाचे तुजे यत्न निर्फळ आसात. तिचो एक पूत गोकुळांत सुखान वाडटा आनी तो योग्य पिराय जातकूच तुजो नाश करतलो.

पुराणकाळांतली आकाशवाणी आनी आतांची आकाशवाणी एक न्हय. त्यो वेगवेगळ्यो आसात. पूण माध्यम एकूच – ध्वनी लहरी – उपगिऱ्यावरवीं वा हेर माध्यमांतल्यान आमच्यामेरेन आवाज पावोवपाचें साधन.

भारतांत आकाशवाणीचो इतिहास आतां उणो पुरो शंभर वर्सांचो आसा. पुराय संसारांत रेडिओ हें साधन पयल्या संसारीक झुजांत अस्तित्वांत आयलें. १९२० मेरेन तें जनसंपर्काचें एक म्हत्वाचें साधन जालें.

भारतांत पयली रेडिओ वितरावणी रेडिओ क्लब मुंबय ह्या संस्थेच्या सहकार्यान १९२३ त जून म्हयन्यांत सुरू जाली. तर कोलकात्याच्या रेडिओ क्लबच्या फुडाराकारान १९२३ त नोव्हेंबर म्हयन्यांत कोलकाता केंद्राची वितरावणी सुरू जाली.

टायम्स ऑफ इंडियान टपाल आनी तार खात्याच्या सहकार्यान मुंबय शारांत एक संगिताची कार्यावळ १९२१ त ऑगस्ट म्हयन्यांत आयोजीत केली. मुंबय प्रांताचे त्यावेळचे गव्हर्नर सर लॉयड हाणें टपाल आनी तार खात्याच्या यंत्रणेच्या पालवान ही कार्यावळ जेन्ना मुंबय प्रत्यक्ष चालू आशिल्ली तेन्ना पुणे शारांतल्यान आयकली. रेडिओ यंत्रणेचो मनोरंजनाखातीर आसो हो घडये भारतांतलो पयलो वापर.

१५ जुलय १९२७ ह्या दिसा इंडियन ब्रॉडकास्टींग कंपनिचें उक्तावण जालें आनी मुंबय केंद्राचे उपचारीक उक्तावण २७ जुलय १९२७ ह्या दिसा व्हायस रॉय लॉर्ड ग्रिर्वीन हांचे हस्तुकी जालें.

आकाशवाणीचें आदलें नांव 'इंडियन स्टॅट ब्राडकास्टींग सर्व्हीस' अशें आसलें. ८ जून १९३६ ह्या दिसा तें नांव बदलून 'ऑल इंडिया रेडिओ' केलें.

आकाशवाणी हें उतर रेडिओ सेवे खातीर सगळ्यांत पयलीं वापरपाचो मान म्हैसूर विद्यापिठाचे मनोविज्ञान विभागाचे प्राध्यापक डॉ. एम. बी.

गोपालस्वामी हांकां फाव जाता. ताणें ही वितरावणी आपल्या घरांतल्यान तीस वॅट मिटरावेल्यान सुरू केली. उपरांत ताणें तातूंत वाड करून तो ट्रान्समीटर २५० वॅटाचो केलो. ताणें आपल्या वितरावणी केंद्राक 'आकाशवाणी' हें नांव दिलें. अशे तरेन 'ऑल इंडिया रेडिओ' आनी 'आकाशवाणी' ह्यो संस्था अस्तित्वांत आयल्यो.

आकाशवाणीच्या केंद्र संचालकांची पयली बसका २८ जानेवारी १९३७ ह्या दिसा जाली. गांवगिऱ्या वाठारांतल्या लोकांखातीर मराठी, कन्नड, आनी गुजराती भाशांतल्यो कार्यावळी १९३८ त सुरू जाल्यो. महाराष्ट्र राज्यात ठाणे जिल्ल्यातल्या भिवंडी ह्या गांवांत पयलो रेडिओ सुरू जालो. राज्यपालान म्हळ्यार गव्हर्नरान ताचें उक्तावण केले. १९३८ रेडिओ आयकुपी परवानेधारकांची संख्या ६४,४८० जाली. आदीं घरांत रेडिओ दवरपाखातीर टपाल खात्यांत परवानो फी फारीक करची पडटाली. १९८० च्या सुमाराक ती पद्धत बंद जाली.

१९३९ हें वर्स रेडिओ वितरावणेच्या नदरेन खास म्हत्वाचें आसा. दुसरें संसारीक झूज सुरू आशिल्लें,. त्या खातीर वेगवेगळ्या भाशांनी खबरांची वितरावणी सुरू केली. १९३९ त सप्टेंबर म्हयन्यांत दिल्ली केंद्रावेल्यान वेगवेगळ्य भासांतल्यान दिसपट्टी २७ खबरां पत्राची वितरावणी सुरू जाली. ही वितरावणी हिंदी, इंग्रजी आनी बांगला ह्या तीन भासांभायर तामीळ, गुजराती, मराठी आनी पुश्ती ह्या चार भासांतल्यान वितरायताले.

इन्फोर्मेशन (म्हायती दिवप) एज्युकेशन (शिक्षण दिवप) आनी एन्टरटेन्मेंट (मनोरंजन) हे आकाशवाणीचे तीन मुखेल हेत आसात. ह्या हेतांचो क्रम बदलूं येता. म्हळ्यार हेतांचे प्राधान्यक्रम मातशे बदलतात. पूण एकंदर परिणामात व्हडलोसो बदल जायना. देखीक सांगपाचें जाल्यार २३-११-१९९७ ह्या दिसा प्रसारभारती महामंडळ वावरावळींत आयलां आनी प्राध्यान्यक्रम तशे बदलल्यातच. कारण आतां कार्यावळी वितरावणे वांगडाच जायरातींवरवीं येणावळींत वाड करप हो मुखेल हेत आसा. तरीय सगळेच दंडक बदलूक नात. णव कलमी कार्यावळी निकश प्रॉग्राम कॉड आजुनय वावरावळींत आसात. हे निकश अशे आसात. म्हळ्यार ह्यो गजाली



टाळपाच्यो आसात.

१) मित्र देशांची टिका, २) धर्म आनी समाजाचेर जमातींचेर टिका, ३) लैंगीक वा मानखंडना करपी मजकुर, ४) हिंसेक प्रोत्साहन दीवप, कायदो आनी सुवेवस्थेक बादा हाडप. ५) न्यायलयाचो अवमान. ६) राष्ट्रपती, सरकार आनी न्यालयीन यंत्रणेच्या प्रमाणीकपणाविशीं दुबाव परगटावप. ७) राजकी पक्षांचेर नाव घेवन टिका करप, ८) केंद्र सरकाराचेर वा राज्य सरकाराचेर विखाळी टिका करप. ९) संविधानाविशीं अनादर उगतावप आनी संविधानात हिंसक मार्गानी बदल करपाक प्रोत्साहन दीवप.

आकाशवाणी हें जनसंपर्काचें साधन. करमणूक

करप हो ह्या माध्यमाचो मुखेल हेत. गिन्यान दिवप ह्या हेताचो क्रम त्या फाटल्यान येता. काय लोक शिक्षण दिवप होच आकाशवाणीचो मुखेल हेत मानतात. आनी साहित्यीक तेचपरीं भाशाशास्त्राचे निकश आकाशवाणीवेल्यान वितरायतात, त्या कार्यावळींक लावपाचे यत्न करतात. पूण हे यत्न योग्य न्हय. खबरांक तर हो निकश निखालस लागू जायना. कारण खबरांचो अणकार करपाखातीर सापूच उणो वगत आसता. त्या वगताभीतर खबरेची आशय लोकांमेरेन पावोवप (कम्युनिकेट करप) होच हेत तडीक व्हरप शक्य आसा. आकाशवाणीखातीर बरोवप आनी आकाशवाणींतल्यान विरायतात त्या कार्यावळीनी सहभागी जावप ही एक कला आसा. जें सांगपाचें आसा तें कोणा खातीर हें आदी समजुन घेवपाक जाय. आयकुप्यांची म्हळ्यार श्रोतृवृंदाची पिराय, शिक्षण, आवड, तांची, सामाजीक आनी सांस्कृतीक फाटभूंय हे घटक म्हत्वाचे आसात. देखीक भुरग्यांच्या कार्यावळी खातीरचें लिखाण युववाणी कार्यावळीच्या लिखाणापरसस वेगळें आसतात. कामगारांच्या कार्यावळी खातीरचें लिखाण शेतकामत्या खातीरच्या कार्यावळीं परस वेगळें आसता. त्याखातीर आकाशवाणी खातीर बरयता आसताना कोण, कित्याक, केन्ना, खंय, कितें आनी कसलें ह्या प्रस्नांची जाप नदरेमुखार दवरपाक जाय.

प्रसार माध्यमांची विपुलताय आशिल्ल्या ह्या युगात रेडिओ वा आकाशवाणी हें माध्यम कालबाह्य जालां काय कितें हो प्रश्न फाटलीं वीस पंचवीस वर्सां लोक विचारतात. वर्तमानपत्रां आकाशवाणीक आव्हान जावंक शकनात कारण तांची मोख वेगळी. जे कोण सादारण बरें बरोवंक, वाचूंक जाणात तांकाच वर्तमानपत्रां उपकार पडटात. रेडिओ हें आयकून समजुपाचें वा आस्वाद घेवपाचें माध्यम. त्याखातीर सुशिक्षितां परस अर्दशिक्षीत आनी अशिक्षीत घटक ही आकाशवाणीची मुखेल मोख. १९८० त आशिया खंड पांवड्यावेली ॲशियाड ही खेळां सर्त नवी दिल्लींत जाली. तेन्ना भारतांत दुरदर्शनाचो विस्तार जालो. गोंयांतूय पणजी दूरदर्शन केंद्र सुरू जालें आनी दूरदर्शन पळोवपी लोकांच्या फर्मायिशीप्रमाण आकाशवाणीक आपल्या कांय कार्यावळिंचें वेळापत्रक बदलचें पडलें. देखीक पणजी केंद्रावेली प्रादेशीक खबरांची वितरावणी सांजे सात ते साडेसात वरांमजगती बरीच बदलत रावली. सध्या ही वितरावणी सांजे आठ वरां वीस मिनटांसावन साडेआठ वरां अशी धा मिनटांची आसता. त्याभायर सकाळीं सात वरां पंचवीस मिनटां ते साडेसात वरां अशी सकाळची आनीक एक प्रादेशीक खबरांची वितरावणी आसता. राश्ट्रीय म्हळ्यार आख्ख्या देश पांवड्यावेली खबरांपत्रां सकाळीं आठ वरां चाळीस मिनटां ते आठ वरां पन्नास मिनटां आनी सांजे साडे स ते स वरां पस्तीस मिनटां अशीं आसतात. आतां लोकांक पांच मिनटां आनी धा मिनटां मुदतिच्यो खबरो आयकुपाक वगत आनी सहनशक्ती नासता. हेखातीर एफ. एम. वाहिनिचेर एका मिनटाच्यो मुखेल खबरो एकेका वराच्या अंतरान वितरायतात.

पोर्तुगेज सरकार आपल्या ''एमीसोर द गोअ'' ह्या रेडिओवेल्यान जो विखाळी प्रचार करतालें ताका जाप दिवपाखातीर १९५३ त मुंबय केंद्रावेल्यान कोंकणी कार्यावळिचो एक भाग म्हण राष्ट्रीय खबरांची वितरावणी सुरू केल्ली. १९९२ मेरेन तीं खबरांपत्रां सकाळी आनी सांजे त्या केंद्रावेल्यान वितरायताले. थंय ती वितरावणी चलोवप कठीण अशी परिस्थिती निर्माण जाल्ल्यान हीं राष्ट्रीय खबरांपत्रां पणजे

हाडली.

रेडिओक दूरदर्शनान आव्हान दिलें. दूरदर्शनाक खासगी वाहिन्यानी आव्हान दिलें. ह्या आव्हानांच्यो परिणाम कांय वगत मात्सो चड जाणवता. मागीर बदलिल्ल्या परिस्थिती वांगडा जुळोवन घेतात. पूण प्रसारमाध्यमां काळाभायरें जायनात. हाची बरी देख अमेरीकेंत पळोवपाक मेळटा. त्या देशांत प्रसारमाध्यमांचो प्रसार सांवार म्हणपाइतलो पराकोटिचो आसा. पूण रेडिओचें म्हत्व उणें जावंक ना. त्या देशाचो राष्ट्राध्यक्ष सप्तकांतल्यान एक फावट आपल्या देशवासियांक लेखून रेडिओवेल्यान उलयतात. आकाशवाणीवेल्यो कार्यावळी आयकुपाखातीर फकत कानाचो वापर करचो पडटा. दोळ्यांचो आनी हातांचो वापर हेर कामाखातीर करूं येता. त्याखातीर विद्यार्थी, प्राध्यापक, लेखक आनी तत्सम कामा करतात तांकां आपले बरोवपाचें, वाचपाचें वा पाठांतराचे काम करता आसतना संगिताचो आस्वाद कानांनी वा श्रवणमाध्यमाचो वापर करून घेवप शक्य आसता. घरांत रांदचे कुडींत काम करपी बायलांखातीर एका काळाक रेडिओ ही विरंगुळो आसतालो. राष्ट्रीय परवानो धारक माल व्हरपी ट्रकांच्या चालकांखातीर तर आकाशवाणीची रातच्या वेळा पुराय रातभर चालू आसता ती राष्ट्रीय प्रसारण सेवा हें एक वरदान थारता.

– अनंत दत्ताराम केळकार

आकाशवाणी कारवार : आकाशवाणी कारवार केंद्र, कारवार शाराचे मध्यवर्ती सुवातेर आशिल्ल्या काजूबाग वाठारांत १३ फेब्रुवारी १९९४ दिसा सुरू जालें. हें कर्नाटक राज्यांतलें १२ वें सर्वसाधारण केंद्र आनी ६ वें एफ्. एम्. केंद्र आसा. सध्याक ह्या केंद्रावयल्यान फकत सांजच्या २.५५ ते रातच्या ९.१६ अशा वेळांत कार्यावळी वितरीत जाता. ह्या केंद्राभोंवतणी पश्चिमी घाटाची रांग आशिल्ल्यान ह्या केंद्राची वितरावणी सुमार ४५ किलोमिटरच्या व्यासाभितर आयकूंक मेळटा. ह्या केंद्राच्यो कार्यावळी १०२.३ एम्. एच्. झेड वेल्यान आयकूंक मेळटा. ह्या केंद्राच्या वितरण मनोऱ्याची उंचाय १०० मिटर आसून ट्रान्समिटराची शक्त २x३ किलोवेट. एफ्. एम्. आसा. हें स्वतंत्र केंद्र आसून हांगा एक भोवउद्देशी आनी एक डबींग स्टुडिओ आसा. उत्तर कन्नड जिल्ल्यांतल्या सुमार साडेआठ लाख लोक ह्या केंद्राच्या कार्यावळिंचो लाब घेता. ह्या केंद्राचेर मुखेलपणान कन्नड भाशेंतल्यान कार्यावळी वितरीत जाता. हिंदी, इंग्लीश आनी कोंकणी भाशेंतल्यो कार्यावळी साप उण्यो आसता. १९९८ वर्सा ह्या केंद्राचे निर्मितीक, रेडिओ डोकुमेंटरींत आकाशवाणीचो पयलो राश्ट्रीय पुरस्कार प्राप्त जाल्लो.

– डॉ. जयवंत नायक

आकाशवाणी गोंय (पणजी) : गोंयांत पयली प्रायोगीक पांवड्यावेली वितरावणी २८ मे १९४६ ह्या दिसा सुरू जाली. जुझे फॅरेरा मार्टीन्स नांवाच्या एका हौशी रेडिओ मोग्यान एका उमेदी पंगडाक एक ट्रान्समिटर भेट म्हूण दिलो. ह्या देणगेन उमेद येवन त्या तरनाट्यांनी नाल्लाच्या कट्टेचो भायल्या आवरणाच्या रुपान वापर करून एक मायक्रोफोन तयार केलो. आनी पणजेच्या प्लेग्राफ स्टॅशनातलो एक इंजिनियर व्हीक्टर कार्व्हाल्यो हांच्या तकनीकी

मार्गदर्शनाखाला वितरावणी सुरू केली. पयली प्रायोगिक वितरावणी २८ मे १९४६ ह्या दिसा जाली. त्याच दिसा गव्हर्नर जनरल डॉक्टर जुझे फेर्रेरा द. सा हाणें त्या वितरावणेच्या उगडासाखातीर एक खास टपाल तिकेट जारी केली. हें रेडिओ केंद्र अधिकृत रितीन पूण प्रायोगीक पांवड्याक चलोवपाविशींची डीक्री (सरकारी आदेश) २५ जुलय १९४६ ह्या

वितरावणेखातीर आनी वीस किलोवॅट तांकिचे दोन शॉर्ट वॅव्ह ट्रान्समीटर दमण आनी दीव सयत अंतर्गत वितरावणेखातीर घेतलें. पूण हे उच्च शक्तिचे ट्रान्समीटर फकत अधिकृत सेवेखातीर वापरताले. वेपारी सेवांखातीर तांचो मात लेगीत उपेग करिनाशिल्ले. १९६० ह्या वर्सा एक पन्नास किलोवॅट तांकिचो शॉर्ट वेव्ह ट्रान्समिटर घेतिल्लो.



दिसा जारी जाली. हें स्टॅशन शॉर्ट वॅव्हचें आनी पांच किलोवॅट तांकिचे आशिल्ले. १९५९ मेरेन हें केंद्र प्रायोगीक पावंड्यारूच चललें. तो मेरेन परिणामकारक संपर्क साधन तशेंच व्यापारी जायरातीं वरवीं येणावळ मेळोवन दिवपाची तांक आशिल्ले साधन म्हूण रेडिओ केंद्राची कार्यक्षमताय सिद्ध जाली. ह्या केंद्राचें पुर्तुगीज नांव एमीसोर द गोअ (Emissor da Goa) अशें आसलें.

त्या पावंड्यार १९५९ त धा किलोवॅट तांकिचो एक शॉर्ट वॅव्ह ट्रान्जमीटर विदेशांखातीरच्या ताचो वापर एकुणीस मिटराचेर दर्यापार सेवांखातीर करपाक लागले.

वेपारी सेवा, पॉल फॉन्तीश नांवाचो एक पत्रकार आनी गाब्रीएल मार्टीन्स नांवाचो एक वेपारी वर्सान वर्स नुतनीकरण जावपी परवान्याखाला १९५९ मेरेन चलयताले. वितरावणे उप्रांतचें वांटप अधिकृत म्हळ्यार सरकारी विभाग सगल्यो कार्यावळी वितरायताले. त्या विशीं सविस्तर सांगप मातशें कठिणूच. एकाच उतरान सांगपाचो जाल्यार त्या काळांत रेडिओ ताच्या मालकाची म्हळ्यार पोर्तुगेज

सरकाराची भुमिका लोकांमेरेन पावयतालो. तातूंत भारत सरकारावेल्या आनी चड करून त्यावेळचे प्रधानमंत्री पंडीत जवाहरलाल नेहरू हांचेवेल्या कडक टिकेचो आस्पाव आसतालो. हो टिकात्मक मजकूर पोर्तुगेज ह्या सरकारी भासेभायर मराठी आनी कोंकणी ह्या थळाव्या भासांनीय वितरायताले.

गोंयचे मुक्तीउपरांत आकाशवाणीच्या पणजी केंद्राची नियंत्रण वेगवेगळ्या मंत्रालयांकडेन हस्तांतरीत जाली. १९ डिसेंबर १९६१ ह्या दिसा गोंय मुक्त जाल्या उप्रांत पयली तें परराष्ट्र वेव्हार मंत्रालयाकडेन त्याउपरांत घरमंत्रालयाकडे आनी अखेरीक एक एप्रील १९६३ ह्या दिसा तें म्हायती आनी वितरावणी मंत्रालयाच्या नियंत्रणाखाला आयलें.

मुक्ती आदीं पणजी केंद्राखातीर जो पन्नास किलोवॅट तांकिचो ट्रान्समिटर घेतिल्लो तो लस्करान आपणाक जाय म्हण व्हेलो आनी खंयतरी शिमे वाठारांत बसयलो. १९६९ त मे म्हयन्यांत प्रायमरी म्हळ्यार मुखेल केंद्राखातीर एक धा किलोवॅटाचो ट्रान्समीटर बसयलो. त्याउपरांत पंचवीस जुलय १९७१ ह्या दिसा पोन्या पांच किलोवॅट ट्रान्समिटराचो वापर करून विवीध भारती सेवा सुरू केली. १९९? त धा किलो वॅट मिडियम वॅट ट्रान्समिटरा बदला शंभर मॅगावॅट ताकिचो ट्रान्समिटर मुखेल केंद्राखातीर बसयलो आनी विवीध भारतीखातीर पांच किलोवॅट तांकिच्या मिडियम वॅव्ह ट्रान्समिटराबदला धा किलोवॅट तांकिचे दोन मिडियम वॅव्ह ट्रान्समिटर बसयले. पणजी केंद्राच्या क्षेपणाच्या तांकीत वाड करप हो ट्रान्समिटरांची तांक वाडोवपाचो हेत आशिल्लो. त्याउपरांत २३ जानेवारी १९९४ ह्या दिसा तीन किलोवॅट तांकिच्या दोन ट्रान्समिटरांचो वापर करून एफ. एम. स्टिडिओ वाहिनी सुरू केली. सुरवात सांजेच्या चार वरां पन्नास मिनटांसावन रातीं अकरामेरेन वितरावणी करपी व्यापारिसेवेवरवीं जाली. ही सेवा चलोवपाखातीर खासगी वितरकांक समय भाडेपट्टीन दिल्लो. ही सेवा १३-११-१९९४ ह्या दिसा सुरू केली. पूण १५ जून १९९८ सावन बंद केली. ही सेवा पांच मे २००५ ह्या दिसा पर्थून प्रसारभारतीच्या अखत्यारींत सुरू केली.

१९८० ते २००६ ह्या काळांत आकाशवाणी पणजी केंद्रान सादर केल्ल्या कार्यावळींक देश पांवड्याक एकंदर णव बक्षिसां वा पुरस्कार मेळले तांची वळेरी अशी आसा.

१९८० त 'मर्णकटो' ह्या पुंडलीक नारायण नायक हाणें बरयल्ल्या नाटकाक पयलें बक्षीस, १९८२ त कोंकणी भाशेतल्या अनुबोध श्रुतिकेक (डॉक्युमेंटरीक) दुसरें बक्षीस, १९८३ युववाणी कोकणींतल्या अनुबोध श्रुतिकेक पयलें बक्षीस, १९९१ रेडिओ नाटकाक पयलें बक्षीस, '२००० शब्दकूंड' ह्या रेडिओ नाटकाक आकाशवाणीच्या वर्सुकी पुरस्कार दबाजांत गुणवत्तेचे प्रशस्तीपत्र २००३ आकाशवाणी वर्सुकी पुरस्कारांतर्गत राजभाशा पयलें बक्षीस. २००६ खास विभाग अनुबोध श्रुतिका गटांत 'काणी उदरगतिच्या मार्गाची' ह्या कोंकणी रुपकाक नवे तंत्र आपणावपाच्या (इनोव्हेटीव्ह) गटांत पयलें बक्षीस.

तेभायर राष्ट्रभाशा पुरस्कार केंद्र सरकाराच्या 'क' विभाग कचेऱ्यांतर्गत १९९९ सावन २००६ वर्सामेरेन एकंदर स मेळल्यात तांचेमदीं १९९९, २००० आनी २००२ ह्या वर्सा पयलो पुरस्कार, २००३ आनी २००५ ह्या वर्सा दुसरो पुरस्कार आनी २००६ ह्या वर्सा तिसरो पुरस्कार मेळला.

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या इतिहासांतलें

उल्लेख करपासारखी आनीक कांय म्हत्वाचीं वर्सां वा दीस अशे आसात.

१९४८ त पोर्तुगेज सरकारान पणजे पांच किलोवॅट तांकिचे मध्यम लहरी (मिडीयम वेव्ह) रेडिओ स्टेशन सुरू केलें आनी ताका 'एमीस्सॉर द गोअ' हें नाव दिलें. १८-१२-१९६१ ह्या दिसा भारतीय लस्करान मुक्ती मोहिमे अंतर्गत बॉंब हल्लो केल्ल्यान आठ वरांचेर तें केंद्र बंद जालें. १९-१२-१९६१ ह्या दिसा गोंय, दमण आनी दीव ह्या प्रदेशांची मुक्ती जाली त्याच दिसा भारत सरकारान 'एमीस्सॉर द गोअ' ताब्यांत घेतलें. ०९-१०-६२ ह्या दिसा 'एमीस्सॉर द गोअ' आकाशवाणी नभोयंत्रणेचें भाग जालें आनी 'रडिओ गोवा' ह्या नांवान त्या केंद्रान वितरावणी सुरू केली.

१९६२ त प्रादेशीक खबरां विभाग सुरू जालो.

एक एप्रील १९६३ ह्या दिसा 'रेडिओ गोवा'चें रुपांतर 'आकाशवाणी पणजी'त जालें. १५ ऑगस्ट १९६५ दिसा खेडेगांव वाठारांतल्या लोकांखातीर 'चावडेर' कार्यक्रम सुरू जालो. १४ जून १९६७ ह्या दिसा 'कुटुंबकल्याण विभाग' सुरू जालो. १ऑगस्ट १९६८ त 'युववाणी' कार्यक्रम सुरू जालो. २५ जुलय १९७१ ह्या दिसा आकाशवाणी पणजी केंद्रावेल्यान 'विविध भारती' सेवा सुरू जाली. ११ जुलय १९७६ ह्या दिसा 'फार्म ॲण्ड होम' म्हळ्यार शेतकाम आनी घरगुती वेव्हार विभाग सुरू जालो. त्याच म्हयन्यांत सव्वीस तारकेक 'शिक्षणीक वितरावणी' सुरू जाली. १० सप्टेंबर १९८५ ह्या दिसा मुखेल वाहिनिवेल्यान म्हळ्यार पणजी 'अ' केंद्रावेल्यान जायरातिंची वितारवणी सुरू जाली. १९९० त आयकुप्यांच्या आवडी निवडिचो अहवाल तयार करपी 'श्रोता अनुसंधान विभाग' सुरू जालो. २ ऑक्टोबर १९९१ ह्या दिसा 'विविध भारती' सेवा नव्या स्वरुपांत सुरू जाली. ४ एप्रील १९९२ ह्या दिसा आकाशवाणी पणजी केंद्रावेल्यान सकाळी आठ वरां चाळीस मिनटांचेर राष्ट्रीय (आख्खो देश पांवड्यावेल्यो) कोंकणी खबरांची वितरावणी सुरू जाली.

२४-१-१९९४ ह्या दिसा एफ. एम. वाहिनिची वितरावणी सुरू जाली. १३-११-१९९४ ह्या दिसा एफ. एम. वाहिनिवेल्या वितरावणेचे हक्क खासगी वितरकांक भाडे पट्टीन दिले. २३-११-१९९७ ह्या दिसा 'प्रसार भारती कायदो' आस्तित्वांत आयलो. ५ मे २००२ ह्या दिसा एफ. एम. वाहिनिवेल्यान दनपारची वितरावणी सुरू जाली.

कोंकणी भाशेच्या उदरगतिच्या नदरेन आकाशवाणीची चड करून मुंबय केंद्राची आनी पणजी केंद्राची भुमिका म्हत्वाची आसा. तशी मंगळूर केंद्राची भुमिका म्हत्वाची आसा. कोंकणी साहित्य, संगीत आनी हेर मळांनी वावुरलेल्या अनेक म्हालगड्यांची नांवां आकाशवाणीकडेन संबंदीत आसात. देखीक अ. ना. म्हांबरो, चंद्रकांत केणी, उदय भेंब्रो, जितेंद्र अभिषेकी, विष्णू कृष्णा नायक, विश्वंभर उसगांवकर आनी जे. एल. गॉमीश. आकाशवाणी पणजी केंद्राकडे संबंदीत वेंचीक नांवां अशी आसात. बाकीबाब बोरकार, शंकर भांडारी, नागेश करमली, पुंडलीक नारायण दांडे, कृष्णा लक्ष्मण मोये, पुरुषोत्तम सिंगबाळ, कमला देवी राव देशपांडे, मुकेश थळी, रमेश सखाराम बर्वे, रामानंद जोशी, वैशाली किर्तनी, मीलन हेगडे, अनंत केळकार, शैलेश रायकार, दिलीप देशपांडे, अतीष नाईक, बालाजी प्रभु गांवकार, शकुंतला भरणे, उषा नायक आनी साईश देशपांडे.

आकाशवाणीच्या मुंबय केंद्रावेल्यान वितरायताले त्यो कार्यावळी आयकून १९५० च्या सुमाराक जल्मल्ली एक पिळगी घडली. पणजी केंद्रावेल्यान वितरायताले त्या कांय कार्यावळिंचो प्रभाव गोंयांत मुक्ती आदीं आनी उपरांत जल्मल्ल्या एके पिळगेक जालो. देखीक मुंबय केंद्रावेल्यान भुरग्यांच्या आंगणांत, आकाबायली चौकी, शाणू बाबालो सोंपो, ह्या सारख्यो कार्यावळी वितरायताले. त्याच धर्तिच्यो कार्यावळी मुक्ती उपरांत आकाशवाणी पणजी केंद्रावेल्यान 'खळारमळार', 'वनी बायली वांसरी' आनी 'बल्कावांचेर गजाली' ह्या स्वरुपांत अवतरल्यो. ह्या कार्यावळिंनी हमीमामा (कृष्णा लक्ष्मण मोये), ताई (कमलादेवी राव देशपांडे), आनी हरी शेट (पुंडलीक नारायण दांडे) हांचो आवाज गोयांतल्या भोवतेक घरांतल्या लोकांक आपल्या घरांतल्या लोकाभितरलो वखळिचो जालो. तीच गत खेडेगांव वाठारांतल्या लोकांबाबतींत 'चावडेर' कार्यावळिंतल्या बाप्पा (कृष्णा लक्ष्मण मोये), ताई (कमलादेवी राव देशपांडे), गोवींद बाब (अनंत केळकार) आनी पावलबाब (पावल फर्नांडीस) हांचे बाबतींत जाल्लो.

मराठी मागण्यांच्या गितांची 'मनपसंत गीतें' ही कार्यावळ म्हळ्यार गजानन देसाय आनी 'मनाजोगती गीतां' म्हळ्यार आलेन कॉश्ता अशीय समिकरणां जाल्लीं.

आकाशवाणींत कांय व्यक्तींक संयोजनांची म्हळ्यार रंगभुमिची परिभाशा वापरून सांगपाचे जाल्यार पड्डच्या फाटल्या सुत्रधाराची भुमिका आपणावंची पडटा. ह्या व्यक्तींक प्रॉग्राम एक्झीक्युटीव वा कार्यक्रम निष्पादक हें नांव वा हुद्दो आसता. आकाशवाणीच्या पणजी केंद्रासंदर्भांत ह्या गटांतल्या फकत एकाच मानेस्ताचे नांव घेवपाचें जाल्यार तें सीताकांत लाड हांचें घेवंचे पडटलें. ताणें नाटकां माचयेवेल्या आनी गायक ह्या गटांत आस्पावपी अनेक कलाकारांक आकाशवाणींत हाडून कला सादर करपाची संद दिली. देखीक मनोहर शिरगांवकार ह्या कलाकारक ताणें आकाशवाणींत हाडलो आनी मनोहर बुवा शिरगांवकार म्हूण नांवारुपाक हाडलो. आकाशवाणीन घडोवन हाडिल्लो बदल गोंयांत सगळ्या संबंधितांनी स्विकारलो आनी मनोहरबुवा शिरगांवकार हांच्या नांवा फाटल्यान भजन सम्राट हें आनीक एक बिरूद जनसामान्यानी मानून घेतलें. नरहरी वळवयकार हांच्या नांवाचें तेंच तरेन नरहरीबुवा वळवयकार अशें रुपांतर जालें.

आकाशवाणींत प्रत्यक्ष सेवेक नासतानाय कांय व्यक्तिनी आकाशवाणीखातीर भोव मोलादीक वावर केला. तांचे मदीं तातोबा वेलिंगकार आनी अलकाताई वेलिंगकार, वसंत सावकार, मनोहर सावकार, दिवाकर शिंदे तेचपरीं तियात्रासंदर्भांत तोमाझीन कार्दोझ हीं नांवा सहज नदरेमुखार येतात.

वा. ल. वझे प्रवचनकार ह्या कलाकाराचें आकाशवाणी मुंबय, पुणे आनी पणजी केंद्रावेल्यान वितरायल्ल्या कार्यावळीं बाबतिंतलें योगदान म्हत्वाचें आसा. ताणें ०१-०९-१९५३ ते १०-०४-१९९७ ह्या ४४ वर्सांच्या कालखंडांत एकंदर १४८ कार्यावळी आकाशवाणीखातीर दिल्यो. डिसेंबर १९५५ ते जून १९५६ ह्या स म्हयन्याच्या कालखंडांत ते आकाशवाणी पुणे केंद्रांत तात्पुर्त्या नोकरेक आशिल्ले. पु. ल. देशपांडे त्या वेळार नभोवाणी शेतकरी मंडळाच्या युनेस्को पुरस्कृत कार्यावळिचे मुखेली अशिल्ले. ह्या विभागांत मेळिल्ल्या म्हायतिचो

वापर करून श्री. वझे हाणें 'नवें जग नव्या वाटा' हें पुस्तक बरयलां. हालींच ताणें 'आकाशवाणी आणि मी' हें पुस्तक बरयलां. अनंत केळकार ह्या निवृत्त वृत्त निवेदकान 'उगडासपटी' हें शिर्शक घेवन आपलें आत्मचरीत्र बरयलां. तातूंत आकाशवाणींतल्या लोकांच्या दृष्टीकोनाच्रेर, तांच्या सुखदुखाचेर उजवाड घाला.

– अनंत केळकार

आकाशवाणी धारवाड : धारवाड शारांत ०८.०१.१९५० त ह्या केंद्राची स्थापना जाली. १ किलोवॅट ट्रान्समिटरान सुरू केल्लें हें केंद्र उप्रांत १० कि. वॅ. (१९६४) २०० कि. वॅ. (१९८७) अशें वाडत वचून आयज तें एक सशक्त अशें केंद्र जालां. ह्या केंद्राखाला, धारवाड, बेळगांव, बिजापूर, उत्तर कन्नड आनी बेलारी अशा पांच जिल्ल्यांतलो सुमार ८००० चौरस किलोमिटर येता, आनी सुमार २६ लाख आयकुप्यांक ताचो लाव जाता. १९६६ त धारवाड केंद्राचें पालवी केंद्र म्हणून गुलबर्गा केंद्र सुरू करून ताचेखाला गुलबर्गा, बिदार आनी रायचूर जिल्ले हाडले. काळांतरान गुलबर्गा केंद्र हें धारवाड केंद्रापासून अलग जावंन स्वतंत्र केंद्र जालें. दिसाक सुमार १२ वरां वितरावणी करपी ह्या केंद्रार शास्त्रीय संगीत, नभोनाट्या, रेडिओ मालिका, फोन इन कार्यावळी, बातम्यो, अशो साबार कार्यावळी व्हडप्रमाणांत जाता. १९६५ सावन ह्या केंद्राचेर 'पंचकदाय' हे कोंकणी कार्यावळीन कोंकणी कार्यावळिची सुरवात जाली. उत्तर कन्नड जिल्ल्यांतले जायत्या कोंकणी कलाकारांनी ह्या केंद्रावयल्यान कोंकणी कार्यावळी सादर केल्या.

– डॉ. जयवंत नायक

आकाशवाणी मंगळूर : आकाशवाणी मंगळूर केंद्र ११-१२-१९७६ दिसा सुरू जालें. ह्या केंद्राचे वितरावणिखाला, दक्षीण कन्नड आनी उडुपी हे कर्नाटकाचे जिल्ले आनी कासरगोड हो केरळचो जिल्लो येता. कन्नड भाशेच्या ह्या केंद्रार कन्नड वांगडा हिंदी, इंग्लीश, कोंकणी आनी तुळू भाशेंतल्योय कार्यावळी वितरीत जाता. १ केवी मंगळूर आनी २० केवी ब्रम्हवर ची क्षमता आशिल्ल्या ह्या केंद्राच्या ट्रान्समिटरावयल्यान सुमार ८ हजार किलोमिटराच्या क्षेत्रफळांतल्या सुमार २७ लाख लोकांमेरेन ह्या केंद्राच्यो कार्यावळी पावता.

हेर परिपूर्ण केंद्राप्रमाण ह्याय केंद्रार सगळे तरेच्यो आनी सगळ्या वयोगटांतल्या, सामाजीक थरांतल्या वेवसायांतल्या आयकुप्यां खातीर ह्या केंद्रावयल्यान कार्यावळी वितरीत जातात. तरीय खासा करून कर्नाटकाच्या लोक वेदाचें सादरीकरण (यक्षगान, भुता कुनिथा, पड्डन आदी) लोककलांच्या माध्यमांतल्यान ह्या केंद्रान हे लोककलेक प्रोत्साहन दिलां. आनी ताची जतनाय करपाक मजत केल्या.

ज्ञानपीठ पुरस्कार प्राप्त कन्नड लेखक डॉ. शिवराम कारंथ हांच्यो मुलाखती, नाटकां, यक्षगान प्रस्तुती, श्री. के. के. पै, डॉ. एन्. के. थिंगलया ह्या उद्योजकांचे विचार, धर्मस्थळ धर्माधिकारी श्री. विरेंद्र हेगडे, डॉ. एम्. हेगडे, संगितकार श्री कद्री गोपालनाथ सारखिल्ल्या राश्ट्रीय-आंतर राश्ट्रीय मळार नामना जोडिल्ल्या मानेस्तांच्यो विचारप्रवर्तक कार्यावळी ह्या केंद्रावयल्यान वितरीत



जाल्या. प्रौढ शिक्षण, युवावाणी, शेती – उदरगत अशे प्रदेशाचे उदरगतिसंबंधी कार्यावळिंचेर चड भर दिला.

ह्या केंद्रावयल्यान वितरीत जावपी दर्जेदार कार्यावळींक जायते राज्य आनी राश्ट्रीय पुरस्कार प्राप्त जाल्यात ते अशे

१) आकाशवाणी वर्सुकी पुरस्कार (१९८४) : दक्षीण विभागांतलें तांत्रीक नदरेन सगळ्यांत बरें केंद्र.

२) आकाशवाणी वर्सुकी पुरस्कार (१९८८) : बेंगरे ह्या चिदंबर बायकमपेडी लिखीत आनी सी. आर. राजशेखरीय निर्मित डोकुमेंटरी.

४) आकाशवाणी वर्सुकी पुरस्कार (१९९१) : 'मागलु हुत्तीदालु' – कुटुंब नियोजन कार्यावळ. लेखन : श्रीमती सारा अबूबाकर. निर्मिती : श्रीमती रमा हिरेमठ.

४) राज्य पुरस्कार : (१९९८) 'बिन्नामाता' नभोनाट्य लेखन : के. टी. गत्ती, निर्मिती : श्रीमती कोन्सेप्त फेर्नांडीस.

५) राज्य पुरस्कार (१९९९) : 'चला बिडादा त्रिविक्रा मारू' फिचर लेखन : आऊरकृष्ण राव निर्मिती : सी. यु. बेल्लाकी. -

६) राज्यपुरस्कार (२०००) : उद्योगपर्व – फिचर.

– **डॉ. जयंत नायक**

आकाशवाणी मुंबय : भारतांत पयली रेडियो वितरावणी मुंबयच्या रेडियो क्लब मुंबय हे खाजगी संस्थेन जून १९२३ त सुरू केली. तेआदीं टायम्स ऑफ इंडिया ह्या वर्तमानपत्र आस्थापनान टपाल आनी तार खात्याच्या सदकार्यान, मुंबय शारांत एक संगिताची कार्यावळ १९२१ त ऑगस्ट म्हयन्यात आयोजीत केल्ली आनी तिची मुंबय, पुणें सारखिल्यां शारांतल्यान वितरावण जाल्ली.

१५ जुलय १९२७ ह्या दिसा, इंडिय स्टेस्ट ब्रॉडकास्टींग सर्वीसीस कंपनीची स्थापना जाली आनी तिचेवरवीं, २३ जुलय १९२७ दीसा, व्हायसरॉय लॉर्ड इर्वीन हाचे हस्तुकीं, मुंबय आकाशवाणी केंद्राचें उपचारीक उक्तावण जालें. उप्रांत इंडीयन स्टेट ब्रॉडकास्टींग सर्वीसिस हें नाव बदलून ८ जून



१९३६ ह्या दिसा तें 'ऑल इंडिया रेडियो' जालें. मुंबय आकाशवाणीचीं सुर्वेक सावन 'अ' आनी 'ब' अशा दोन केंद्रांतल्यान कार्यावळी वितरीत जाता. तशेंच २१-०९-१९८० त एफ्एम् (रेनबो) आनी ०१-०९-२००१ त एफ्एम् (गोल्ड) ही आधुनीक तरेचीं केंद्रां सुरू जालीं.

आकाशवाणी मुंबयची स्वताची निर्मिती तशें राश्ट्रीय कार्यावळीची वितरावणी जाता. ही वितरावणी महाराश्ट्रांतल्या मुंबय, ठाणे आनी रायगड जिल्ल्यांच्या प्रदेशाखातीर आशिल्ल्यान, ती इंग्लीश, हिंदी, मराठी, उर्दु, सिंधी, संस्कृत, गुजराथी आनी कोंकणी भाशेंतल्यान जाता आनी ती सुमार सव्वादोन कोटी

लोकांक आयकुपाक मेळटा.

ह्या केंद्रार वितरावणी खातीर ९, रिकोर्डींगाखातीर १०, डबींग खातीर ११, आनी हेर कामाखातीर १ अशे स्टुडिओ आसात. आकाशवाणी मुंबय हें खूप पोरणें रेडियो केंद्र जाल्ल्यान हांगा रिकोर्डी, टेपी, सीडीच्या रुपांत व्हड प्रमाणांतलें आदलें आवाज दायज (संगीत आनी गद्य) आसा. ते भायर सुमार णव हजार संबंधीत ग्रंथ आसात. लागीं लागीं सगळ्यांच नामनेच्या कलाकारांनी आकाशवाणी मुंबय केंद्राचेर आपल्यो कार्यावळी सादर केल्यात.

पुरक नोंद : आकाशवाणी

– सं. मं.

आकाशगुड्डू : पळयात : आकासदिवो



आकासदिवो (आकाशगुड्डू): दिवाळेक हिंदू समाजांत कागदाचो दिवो घराभायले मेकळे सुवातेंत, ऊंचायेर लायतात. ताका आकासदिवो म्हणतात. ऊंच मळबांत (आकाशांत) लायता, म्हणून ताका आकासदिवो नांव पडलां आसूं येता. दिवाळी ही परब दिव्यांची अशे मानिल्ल्यान आकाशदिवो पेटोवपाची पद्दत आयल्या आसूं येता. पारंपारीक आकाशदिव्याचो आकार स कोनी आसून ताची वयली आनी सकयली बाजू उत्की आसता. पारंपारीक आकाश दिवो करपाक कोंड्याच्यो बारीक कांबी तासून, आकास दिव्याच्या आकाराप्रमाण स चवकोन करतात. वयर आनी सकयल दोन चवकोन दवरून तांच्या मदीं उरिल्ले चार चवकोन सम अंतराचेर अशेतरेन बांदतात की चारूय, चवकोनाच्यो दोडी एकामेकांक मेळतात. कांबिंचो सांगाडो उबो जातकीच मागीर ताचेर वेगवेगळ्या रंगाच्यो पातळ फोली (पेपर) दसयतात. चवकोनाच्या कांठार लाखी फोलिचे कातरे (देग) लायतात. कांय वेळा कात्र्यांच्या जाग्यार फुगे लावप जाता. चवकोनाच्या मदल्या भागांत तशेंच त्रिकोनाच्या मदल्या भागांत फोलिचे डिजायन (कमळां) करून दसयतात. आकासदिव्याच्या सकयल्या चवकोनांत पटे लांबयतात. सकयल्या चवकोनांत भितरल्ल्यान दोन बडयो बांदून बडयांमदीं तणांचें निवणे दवरून उजवाडाखातीर पंटेची बसका करतात. वयल्या चवकोनांत दोरी बांदून आकासदिवो हुमकळपाची वेवस्था करतात.

आदल्या तेपार वल्लेचो (घुवतो) आकासदिवो

करताले. ह्या आकाशदिव्याचे दोन भाग आसताले. एक भायलो चवकोनी वा वाटकुळो आनी भितरलो भाग वाटकुळो. भितरलो भाग वल्लेच्या आकाराचो आशिल्ल्यान ताका वल्ली म्हणतात. आनी भायल्या भागाचेर चित्रां दिसतात म्हणून ताका पड्डो म्हणटात. वल्लेच्या वयल्या भागाच्या मध्याक वायनाचो आकार आशिल्ल्यान धातुचो कुडको (मोल) बांदतात. भायल्या पड्ड्याच्या भागाच्या मध्याक एक बडी उबी करून तिच्या वयल्या टोंकार सुये सारको तोंकदार धातुचो कुडको बसयतात. वल्लेचे वयलें तोंड गिरगिऱ्या सारक्या कागदाच्या पात्यांनी बंद करतात. सुयेचे तोंक वायनार दवरतात. भायल्या भागाच्या सकयलेवाटेन पंटी दवरपाची वेवस्था करतात. पंटी पेटयल्या उपरांत वातिचो झोत आनी गरमी वल्लेक लागिल्ल्यान गिरगिऱ्यांत गेल्ल्या उपरांत, गिरगिरें वल्लेक घुंवडायता. घुंवपी वल्लेक लायिल्ली चित्रां (मनीस, जनावरां, पक्षी) भायल्या पडड्याचेर आपली सावळी घालतात आनी अशेतरेन हो आकासदिवो म्हणजे चल्लत्या चित्रांचो पट जातालो.

आयच्या काळांत पारंपारीक आकाशदिव्या वांगडाच आधुनीक पद्दतिचे वेगवेगळ्या आकाराचे कागदाचे आनी चडशे प्लास्टिकाचे, दोडिचे आकाशदिवे बाजारांत उपलब्ध जातात. आधुनीक आकाशदिव्यांनी पंटी, तेल, वातिच्या जाग्यार उजवाडाखातीर बल्बांचो वापर करतात. तशेंच आदल्या तेंपावयली व्हडलो कोंडो बांदून आकाशदिवो वयर बांदपाची पद्दत गेल्या आनी घरांतल्याघरांत आकाशदिवो लावपाची पद्द जाल्या.

हिंदू मर्दी जशी दिवाळेक आकास दिवो लावपाची पद्दत आसा तशी क्रिस्तांवामदीं नाताळाक नखेत्रां आकाराचो आकाशदिवो लावपाची पद्दत आसा.

– **सं. मं.**

आग्नेल आश्रम : आग्नेल आश्रमाची स्थापनां ९ जून १९५७ त मुंबयच्या बांद्रा वाठारांत फा. कोसेसांव मेनिनु रोड्रिक्स आनी हेर पाद्रिनी केल्ली.

भारताच्या वेगवेगळ्या समाजांतल्या लोकांमदीं मोग आनी समाजिकायेची वाड, शिक्षणीक आनी धर्मदायी संस्थावरवीं करची ह्या उद्देशान हो आश्रम स्थापन केल्लो. गोयांत सालसेत तालुक्यांतल्या वेर्णा गांवांत १९७९ वर्सा फा. आग्नेल आश्रमाचो फांटो उक्तो केलो. वेर्णा पठाराचेर ४० एकर जमनिचेर वशिल्लो हो प्रकल्प गोंयच्या युवकांची तांत्रीक आनी हेर संबंधीत शिक्षणाची गरज भागोवपाची ह्या आश्रमान मोख दवरिल्ली. शिक्षणीक तेच प्रमाण खेळ, संगीत, नाटक सारकिल्ले उपक्रम उपलब्ध करून दिवपाची ह्या आश्रमाकडेन सुविधा आसात. आधुनीक, तांत्रीक, प्रसार माध्यमां आनी गिन्यान माध्यमांचे सुविधा



वरवीं पुराय वाठारांतले उपक्रम एकामेकांकडेन जोडून उरपाची हांगा सोय आसा. हांगा शिकपी भुरग्यांची सर्वांगी उदरगत जावची म्हणून शिक्षणीक इमारतीवांगडाच हांगा फुटबॉल, बास्केटबॉल टेबल टेनीस, कॅरम, बॅडमिंटन खेळांखातीर हांगा उच्च दर्जाच्यो सुविधा हांगा उपलब्ध आसात. सांस्कृतीक आनी वैचारीक कार्यावळी आयोजनाखातीर सुमार एक हजार बसकांची क्षमता आशिल्लो आधुनिकतरेचो हांगा एक 'ऑडिटोरियम' आसा. १९८० त एका विभागान सुरू केल्ल्या ह्या शिक्षणीक संकुलांत आयचे घडयेक ११ वेगवेगळ्या शिक्षणीक संस्थांनी सुमार ७,००० विद्यार्थी वेगवेगळ्या शिक्षणीक फांट्यांनी शिक्षण घेतात.

पाद्री कॉंसेसांव कॉलेज ऑफ इंजिनियरींग:

१९९७ त सुरू केल्ले म्हाविद्यालय गोंय सरकार, ऑल इंडिया काऊन्सील फोर टॅक्नीकल एज्युकेशन आनी गोंय विद्यापीठाक सलग्न आसा. ह्या म्हाविद्यालयांत चार पदवी अभ्यासक्रम आनी एक पदव्यूत्तर अभ्यासक्रम आसून विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन करपी जाणकार शिक्षक वर्ग आनी सुसज्ज अशो प्रयोगशाळा आनी वाचपघरां आसात.

आग्नेल पोलिटॅक्नीक :

आग्नेल पोलिटॅक्नीकची स्थापनां १९८० जावन तें गोंय सरकारच्या बोर्ड ऑफ टॅक्नीकल एज्युकेशनाक सलग्न आसा. तशेंच ताका ऑल इंडिया काऊन्सील ऑफ टॅक्नीकल एज्युकेशनची मान्यताय आसा. जागतीक बँक (१९९४) आनी कॅनडा इंडिया इंडस्ट्री इंस्टट्यूट ह्या दोन आंतरराष्ट्रीय संस्थांनी आपले प्रकल्प गोंयांत चालीक लावपाक ह्या पोलिटॅक्नीकाची निवड केली. हांगा भारत सरकाराच्या मिनिस्ट्री ऑफ ह्युमन रिसोर्स डेवेलोप्मेंट मंत्रालयाच्या आधारान कम्युनिटी पॉलिटेक्नीक हो बायलांखातीर आशिल्लो विभाग सुरू केला. हातूंत सर्वसादारण पांच पदविका - अभ्यासक्रम आनी दोन बायलांखातीर अभ्यासक्रम

चलता.

आग्नेल इंस्टिट्यूट ऑफ फूड क्राफ्ट ऍण्ड कलिनरी सायन्सीस :

२००४ त सुरू जाल्ल्या ह्या विभागांत तीन वर्सांचो 'हॉटेल मॅनेजमेंट ऍण्ड कॅटरीन टॅक्नोलोजी' हो पदविका – अभ्यासक्रम शिकयता. ते भायर हॉटेल वेवसाय संबंधीत ल्हान काळाचे अभ्यासक्रमूय शिकयतात.

आग्नेल इंडस्ट्रीयल ट्रेनींग इन्स्टिट्यूट :

१९८० त सुरू केल्ले ह्या विभागांत फिटर, इलेक्ट्रीशन, डिझल मेकानीक, आनी मेस्तपण अशे जहाज येरादारीक लागपी अभ्यासक्रम हांगा शिकयता.

फा आग्नेल मल्टीपर्पज स्कूल :

ह्या विभागांत प्रायमरी शाळा (१९८१) माध्यमीक शाळा (१९८४) आनी उच्च माध्यमीक शाळा (१९८९) अशे तीन विभाग आसात. माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळेंत सर्व साधारण विशयावांगडाच वेवसायीक अभ्यासक्रम शिकोवपाची सोय आसा.

आग्नेल एन्टप्रेनरशीप डेवेलोप्मेंट इंस्टीट्यूट :

बेकार भुरग्यांक काम दिवच्या उद्देशान २००० वर्सा ही संस्था सुरू केली. हे संस्थेवतीन दुबळ्यांक तशें बेकार लोकांक रोजगार उपलब्ध करपाच्या कामांत ही संस्था मिनिस्ट्री ऑफ सायन्स ॲण्ड टॅक्नोलोजी भारत सरकार, स्मॉल इंडस्ट्रीस डेवेलोप्मेंट ऑफ बँक इंडिया, खादी एण्ड विलेज इंडस्ट्री कमीशन, नेशलन बँक ऑफ ऍग्रीकल्चर ॲण्ड रूरल डेवेलोप्मेंट, गोवा हेंण्डीक्राफ्टस् रूरल ऍण्ड स्मोल स्केल इन्डस्ट्री डेवेलोप्मेंट कॉर्पोरेशन हांचो आदार घेता. आतामेरेन हे संस्थेवतीन सुमार तीन हजार ल्हान धंदे करपाक मदत केल्या.

आग्नेल वोकेशनल ट्रेनींग इंस्टिट्यूट :

भारत सरकारच्या मिनिस्ट्री ऑफ सायन्स एण्ड टेक्नोलोजिच्या आदारान २००४ त सुरू केल्ले संस्थेचे वतीन ३ म्हयन्याच्या काळाचे कुशळ वेवसायाचें प्रशिक्षण दितात. हांगा अनुसुचीत जातिंतल्या भुरग्यांक प्रोत्साहन मेळचें म्हणून फुकट प्रशिक्षण दिता. गांवगिऱ्या वाठारांतल्या भुरग्यांक सोपें पडचें म्हणून हे संस्थेचे फांटे काणकोण ते पेडणे मेरेन उक्ते करून गांवच्या लोकांच्या दाराकडेन शिक्षण पावयलां.

कॅनेडीयन इंटरनेशनल एजन्सी :

कॅनेडीयन इंटरनेशनल एजन्सिच्या सहकार्यान २००५ त गांवांतल्या बायलांचें आरोग्य सुदारपाच्या नदरेन तांकां शिक्षीत करपाचो प्रकल्प आग्नेल शिक्षणीक संकुलावतीन चलता. ते भायर युनायटेड नेशनस् डेवेलोप्मेंट प्रोग्राम आनी भारत सरकारच्या सायन्स आनी टेक्नोलोजी विभागाच्या सहकार्यान गांवच्या गरीब बायलांखातीर आप मजत गट सुरू करून स्वयं रोजगार येवजण चालीक लायल्या. हे येवजणेखाला 'सुग्रण' नांवांन हे आपमजत गट वेगवेगळीं खाणां तयार करून लोकांक विकून गांवांतल्यो बायलो आर्थीक नदरेन स्वावलंबी जाल्यात.

कॉसेसांव बालग्राम अनाथालय :

फा. कॉसेसांव रोड्रीग्स हांच्या नांवान सुरू केल्ले ह्या अनाथालयांत प्रत्येकी १० अनाथ भुरगीं आशिल्लीं. २२ कॉटेजी आसात. जात, धर्म पळयनासतना हांगा अनाथ भुरग्यांक प्रवेश दितात. आनी तांचे संगोपन करतात. जेन्नां हीं भुरगीं सज्ञान जातात तेन्नां तांकां समाजांत स्थायीक जावपाक मदत करतात.

आग्नेल आश्रमाचे फुडाराचे येवजणेंत केंद्र

सरकाराच्या सहकार्यान आधुनीक टूल रूम आनी प्रशिक्षण केंद्र तशेंच हॉटेल मेनेजमेंट आनी कॅटरीन टॅक्नोलोजी म्हाविद्यालय आजगांव – गोंय हांगा सुरू करपाचो प्रस्ताव आसा.

– फ्र. पेद्रू एम्. रोड्रीगश

आग्वाद किल्लो : पणजी (गोंय) शाराच्या सामकार, मांडवी न्हंयचे उत्तर देगेर हो किल्लो बांदला. पुर्तुगीज राजा फिलीप II च्या कारकिर्दींत, १६०४ त ह्या किल्ल्याचे बांदावळिची सुरवात जाली आनी १६१२ त तो बांदून जालो. ह्या किल्ल्याचे पुर्तुगीज नांव ''सांता काथेरिना'' आसलें. पूण ह्या किल्ल्याचेर जहाजां आपलो उदकाचो पुरिमेंत (सांठो) करपाक येतालीं पुर्तुगिजींत उदक म्हणजे आग्व (Agua) पुर्तुगीज आरमारी जहाजांक उदर भरपाची सुबात हाचेंवयल्यान ह्या किल्ल्याक 'आग्वाद' हे नांव पडलें. ह्या किल्ल्यांत दोन दशलक्ष गॅलन उदक रावपाची क्षमता आशिल्ली कोळमी (टाकी) आसली.

वयलेवटेनच्या किल्ल्याच्यो मुखेल भागांत तटबंदी आनी दर्यावटेन दोन विशाल बुरुज आनी हेर स बुरुज आसात. जमनीमेरेनच्यान ह्या किल्ल्याच्या संरक्षणाक मदत जावंची म्हणून किल्ल्या सभोंवतणी खंदक खणिल्ले, जे सद्याक बऱ्याच प्रमाणांत पुरवल्यात. ह्या किल्ल्याची मुखेल सुवात म्हणजे तळघर वा बंदखणिची कोठी. ही कोठी राजकीय तशे हेर बांद्यांक (कैद्यांक) बंदखणिची ख्यास्त भोगपाखातीर वापरताले. मराठ्यांचो राजदूत अण्णाजी प्रभू आनी ताचे दोन नातेवाईकांक हांगां १७४२ त बंदखणींत दवरलेले. ते भायर दोन दारूगुळो दवरपाच्यो कुडी, दोन शस्त्रागरां, दोन बंदखणी, चार मिलिटरी निवास



आग्वाद किल्लो

१०७

(बॅरेक्स) आनी 'अवर लेडी ऑफ गुड वॉयेज' चे एक कपेल हांगा आसा. किल्ल्याच्या वयल्या भागांत, जहाजांक मार्गदर्शन करपी दीपस्तंभ आसा.

१६०४ त डच आरमार मांडवी न्हंयच्या तोंडार पावले तेन्ना, सागरी आक्रमणाची सुचना आनी ताचेपासून पुर्तुगिजांच्या गोंय वसाहतिचें संरक्षणाखातीर सागरमार्गाचेर म्हणजे आग्वाद अनी मुरगांव हांगा किल्ले बांदपाची गरज पडली. आनी पुर्तुगिजांनी हे दोनय किल्ले बांदून घेतले. एकदां मराठ्यांनी हो किल्लो घेवपाचो यत्न केलो, तेन्ना ब्रिटिशांची मदत घेवन पुर्तुगिजांनी मराठ्यांचो यत्न सफल जावंक दिलो ना. १८०८ त हो किल्लो ब्रिटिशांच्या अधिकाराखाला



आग्वाद दिपस्तंभ

आयलो. सागरी आक्रमणाचेर नदर, गरज पडल्यार प्रतिहल्लो करपाची तयारी करपाक मदत, वाऱ्या वादळापासून संरक्षण घेवपाक जहाजांक विसव आनी उदक, दारु गुळो आनी हेर गरजेच्या सामानाची कोठी म्हणून ह्या किल्ल्याचो भोव उद्देशी उपेग जालो.

गोंय स्वतंत्र जातकर ह्या किल्ल्यांतले बंद खणिचो वापर मध्यवर्ती बंदखण म्हणून गुन्यावकारांक बंदखणींत घालूंक जावंक लागला. दर १९ डिसेंबर ह्या गोंय स्वातंत्र्यदिसा गोंयांतले स्वातंत्र्य सैनीक, ह्या किल्ल्याक भेट दिवन थंय हो दीस मनयता आनी ह्या किल्ल्याचे सुवातीक तेंकून 'आग्वाद बीच रिसोर्ट' नांवाचें एक पांच नखेत्री हॉटेल सुरू जालां.

– सं. मं.

आगटें : शेटिली (सोनाराली) रुपें, भांगर आनी हेर धातू तापोवपाची, विरगळपाची (वितळपाची) वा पासपाची (दसोवपाची) शेगडी. हें उतर 'आग' म्हणजे उजो आनी तो तयार करपाक कोळशावरवीं केल्ल्या मातयेच्या आयदनांतली वेवस्था मेळून ताका आगटें अशें म्हणटात. ह्या मातयेच्या आयदनांतले कोळशे पेटोवन आनी बारीकशे नळयेन तातूंत उजो फुलोवन शेट भांगर, रुपें वा हेर धातुचो कुडको चिमट्यान उज्यार धरता आनी मागीर तापिल्ल्या धातूक हातोडेच्या आदारान धाडावन जाय तसो आकार दिता. तेचप्रमाण वस्तिंचे जोड पासपाखातीरय (जोडपाखातीरय) ह्या उज्याचो वापर करतात. आदल्यातेंपार ह्या आगटपार काम करताना आगट्याच्या कोळशांनी भांगरा – रुप्याचो कस (चुरो) पडटा तो शेटीन काडचो नासतालो. तर तो तसोच सोडचो आसतालो. शेट समाजाचें गोंयांत, कासारपाल हांगा कालिका देवीचें देवूळ आसा. त्या देवळावरवीं ह्या कसाची पावणी जाताली आनी ते पावणेवरवीं देवीक उत्पन्न जातालें. पावणी घेवपी शेटिच्या आगट्यांतलो गोबर एकठांय करून तो उदकांत खिरोवन, तातुंतल्यान भांगरा – रुप्याचो कस (कण) काडून व्हरतालो. आतां ही पद्दत बंद जावपाकडेन पावल्या. आतां गांवांनी शेटपण करपाचो वेवसाय बरोच उणो जाला. आतां भांगरा – रुप्याच्यो वस्ती चडशो मशिनाचेर करतात आनी त्यो तयार –

पारंपारीक आगटें

स्वरुपांत दुकानांचेर विक्रेक आसता. अशें आसलें तरी भांगरा – रुप्याचो वस्ती करपाचे प्रक्रियेंत पासपाच्या कामाक आजय आगट्याची गरज लागता. आयच्या काळांतलें आगटें हें आदल्या काळांतल्या आगट्या परस वेगळें आसता.

– सं. मं.

आगर : माड, सुपारी पिकोवपाच्या कुळागराक, मीठ तयार करपाच्या शेतांक आनी नुस्तें पिकोवपाच्या शेतांक आगर (खाजन) म्हणटात. ह्या आगरांत काम करपी लोकांक आगरी म्हणटात.

पुरक नोंद : आगरी, कुळागर, खाजन, मीठागर.

– सं. मं.

आगरी : पळयात : समाज कोंकणी

आघाडो (कांटमोगरी) : (मराठी – आघाडा, गुजराती – अघेडो, संस्कृत – अपामार्ग, कन्नड – उत्तरणी, इंग्रजी – प्रिकली – शॅफ फ्लॉवर, लॅटीन – ॲचिरँथस ॲस्पेरा लिन).

एक वखदी वनस्पत. १ ते २ मी. उंचाय आशिल्ली ही वनस्पत. हाची खोड बहुकोनी, पन्हळीयुक्त, सादीं वा मुळांपसून फांद्यो आशिल्ली, तांबडी, जांबळ्या रंगाची. दाट पानां, दिर्घवृत्तितांतयां आकाराची वा व्यस्त – गोल तांतयां आकाराची (ऑबओव्हेट – राऊंडेड) पूण आकार विवीध आसात. हे वनस्पतीक पाचवीं – धवीं फुलां फुलतात. हाची फुलां तेंकून वा तोंकार ७५ सें. मी. लांबाय. दंडगोल, तोंकार छेदित (ट्रंकेट), पोंदच्यान गोल आनी तांबडी – तपकिरी रंगाची फळां लागतात. हे वनस्पतीची कांय जाती आसात. तातुंतली ॲचिरँथस ॲस्पेरा व्हरा, पॉर्किरिश्टॅशिया (वॉल. एक्स मॉक) हूक. एफ ह्यो दोन जाती म्हत्वाच्यो आसात. कांय तज्ञांनी मात हाची स्वतंत्र म्हणून नोंद घेतल्या. आघाडो तांबडो आनी धवो अशो दोन जाती आसात.

आघाडो ही वनस्पत गोंयांत चडशा सुवातिंनी पळोवंक मेळटा. चडकरून पावसाच्या दिसांनी रस्त्या कुशीक, मोकळ्या सुवातेर तीं दिसतात.

आघाड्याच्या पानांचो बरेतरेन उपेग करूं येता. आघाड्याची सुकिल्लीं पानां शिजोवन खातात. गोरवांकूय हीं पानां खावड म्हणू घालतात. हे वनस्पतिंची फळां दुदांत घालून शिजयल्यार पौश्टीक आहार मेळपाक मजत जाता. आघाड्याच्या सगळ्या झाडांनी अँचिरँथाइन आनी बी टेन ही अल्कलॉइडां आसात. ॲचिरँथाइन हे उदकांत वितळपी अल्कलॉइड आशिल्ल्यान आंगांत रगत बरेतरेन घोळपाक मजत जाता आनी रक्तदाबूय कमी जाता. हीं झाडां लासल्या

उपरांत उरिल्ल्या गोबरांत पोटॅशचे प्रमाण भरपूर आसात. हो गोबर जलसंचय (ड्रॉप्सी), दमो आनी खोकली हांचेर बरो गूण दिता. उपदंशाचेर (गोनो – हीया) तशेंच चड घाम येवप हाचेर ह्या पानांचो उपेग जाता. जखम जातकच जखमेंतल्यान न्हांवपी रगत बंद करपाखातीर ह्या मुळांचो उपेग करतात. सुकिल्ल्या फुलांचो पिठो करून त्या पिठ्यांत धंय साखर घालून घेतल्यार मासीक अतिस्त्रावाचेर गुणकारक थारता. हाका लागपी फुलांचो पिठो ताकांत घालून घेतल्यार पित्ताची जळजळ थांबता. हाच्यो बियो वांतिकारक आसता. आघाड्यापसून 'ॲचिरँथस ॲस्पेरा' ह्या नांवाचे वखद तयार करतात. आघाड्याचें शास्त्रीय नांवूच ह्या वखदाक दिलां. तकली फोडप, खोकली मारप, रातांधळेंपण, दोळे येवप, तोंडार पुळेर येवप, पोटांत गुरगूरप, पातळ परसाकडेन जावप आदी, अशा वेगवेगळ्या विकारांचेर आघाड्यापसून तयार केल्लें हें वखद गुणाक पडटा. हातुंतलो खंयचेंय उपेग वखद म्हणून करचेपयलीं जाणकाराची बुद्द घेवंची. आघाडो ही वनस्पत फक्त वखदां पुरतीच उपेगी थारना तर हिंदू धर्मांत नेमिल्ल्या कांय विधी आनी सणां – परबां वेळारुय हे वनस्पतिचो उपेग केल्लो दिश्टी पडटा. हाची पानां पत्रपुजेवेळार वापरतात. ऋषिपंचमिचो जो कोण व्रत करता ताणें ह्या वनस्पतिच्यो काड्यो काडून दांत घासप आनी ताची पानां कपलार दवरून न्हांवपाची चाल आसा. हो गौरी देवीचो प्रतिनिधी अशें मानलां. देवीक हाची पत्री खूब आवडटा. ग्रहयज्ञांत बुधाखातीर हाची समिधा वापरतात. वेदीक वाङ्मयांत अभिचाराखातीर हाचो उपेग सांगला. आदल्या काळार मेल्ल्या मड्याची अस्थी जमनींत पुरल्याउपरांत न्हांवचेपयलीं ह्या वनस्पतिंच्या आदारान शुद्ध करपाची चाल आशिल्ली. भाद्रपदांत ज्येष्ठागौर बसयतातूच. ह्यावेळार आघाड्याची रोपां एकठांय करून तीं बांदून तांब्यांत (कळस) दवरतात आनी ताचेर गौरीचें चित्र बांदतात. हे खातीर आघाड्याक खाशेलें अशें महत्व आसा.

– सं. मं.

आजगांवकर, जगन्नाथ रघुनाथ : (जल्म : १६ ऑगस्ट १८७९, वराड, मालवण, मरण : २७ ऑगस्ट १९५५, मुंबय)

मराठी कवी, संतचरित्रकार, टिकाकार आनी संत वाङ्मयाचे अभ्यासक.

ताणें आठवीमेरेन शिक्षण घेतलें.

सुरवातेक आजगांवकारान 'गुराखी' नांवाच्या नियतकालिकांत लेखन केलें. मागीर तो 'केसरी' ह्या नेमाळ्यांत बरोवंक लागलो. कांय काळ 'इंद्रप्रकाश'च्या संपादकीय विभागांत काम करतगीर 'ज्ञानांजन' नांवाचें स्वतःचें म्हयनाळें ताणें चलयलें. पूण कांय काळा उपरांत ते बंद पडटकच अच्युतराव कोल्हटकराच्या 'संदेश' कार्यालयांत ताका काम मेळ्ळें. 'रणगर्जना' आनी 'सुधारक' ह्या नेमाळ्याचे संपादक म्हण कांय काळ काम करतगीर ताणें संतवाङ्मयाच्या संशोधनांत पुराय लक्ष घालें.

आजगांवकार, एक बरो वक्तोय आसलो. १९०९ चे पुण्याचे संमेलन आनी १९१० चे वसंत व्याख्यानमालेत (पुणे) ताची व्याख्याना गाजल्यात. आठवी मेरेन उपचारीक शिक्षण घेवनय मुंबयच्या मॅट्रिकच्या परिक्षेंत तशेंच नागपूर विद्यापिठाच्या बी. ए. आनी एम. ए. परिक्षेंत ताची पांच वर्सां परिक्षक म्हूण नेमणूक जाल्ली.

आजगांवकारान कांय पुस्तकांय बरयल्लीं. 'मराठी

आद्यकवी श्री ज्ञानदेव' (१९२३), 'श्रीसमर्थचरित्र' (१९३५), 'महाराष्ट्र संत कवयित्री' (१९३९) हे ताचे म्हत्वाचे ग्रंथ जावन आसात. ताच्या संपादीत पुस्तकांत 'श्री तुकारामबुवाचे अप्रसिद्ध अभंग' (१९२२), संतकविच्या भगवद्गितेवयल्या टिकेचेर आदारिल्ली 'भगवद्गीता भाग – पहिला. अध्याय पहिला' (१९३१) हो झेलो आनी महिलपतिच्या भक्तविजयांतली 'श्री एकनाथ – तुकाराम चरित्र' (१९४४) ह्या पुस्तकाचो आस्पाव जाता.

आजगांवकारान कांय कविच्या वेंचीक कवितांचो जेलो संपादीत केला (१९२८). 'कवनकुतूहल' (१९०१) हो कवितांझेलो तशेंच 'प्रणयविकसन' (१९१०) आनी 'प्रेणयानंद' (१९१०) हीं संगीत नाटकां तेंचप्रमाण कांय पुराणकथा, भुरग्यांच्यो काणयो, निती कथा अशें ताचें ललित साहित्य आसा. 'नेपाळवर्णन' (१९०६) आनी 'भरतपूरचा वेढा' (१९१९) 'चक्रवती हम्मी,' 'भारतीयांचे वेद,' 'संत गोपाळबुवा माळगांवकर', 'विद्वान सोबती की कुशल सुगृहिणी' हे ताचे इतिहासीक बरोवप. तशेंच ताणें कितलीशींच पुराणकथा, बालकथा, नितिकथाय बरयल्यात.

१९०७ ते १९३५ च्या काळांत ताणें बरयिल्ल्या महाराष्ट्र कविचरित्राचे ९ भाग उजवाडाक आयले. नामनेच्या, अपरिचीत आनी नव्यानूच संशोधीत केल्ल्या शंभरावयर पुर्विल्ल्या कविंचो तातूंत आस्पाव आसा. कविंची चरित्रासयत माहिती आनी तांच्या काव्याची फोडणिशी करून दिल्लें रसग्रहण अशी मांडवळ तातूंत आसा. संतचरित्रांतल्या अजापांच्या आनी अप्रुपांच्या चमत्कारांची वळख करून दिवन भाविकतेन आनी पुराय रसिकतेन बरयल्लीं हीं कविताचरित्रां खासा करून संकलनात्मक आसा. इतिहासीक नदर, शास्त्रीय संशोधन आनी विश्लेषण तातूंत दिसून येता.

अध्यन आनी ताच्या वाङ्मयीन टिकेक लागून ताका नामनां मेळून 'महाराष्ट्र भाषाभूषण' ही पदवी ताका फाव जाल्ली.

– सं. मं.

आजगांवकार, राजाराम शांताराम उर्फ राजाभाऊ : (जल्म : १९२९ आजगांव, ता. सावंतवाडी, जि. सिंधुदूर्ग, महाराष्ट्र)

नामनेचो दशावतारी कलाकार. आर्थीक कारणांक लागून तांणें चौथी मेरेन शिक्षण घेतलें.

राजाभाऊक, ल्हानपणापसुनूच अभिनय करपाची आवड आसली. शाळेंत आसतना नाटकां, नकलो, अशा वेगवेगळ्या कार्यावळींत तो भाग घेतालो. तशेंच चौथेंत आसतना 'कंसवध' ह्या पौराणीक नाटकांत ताणें भुमिका केल्ली.

१९४५ वर्सा, देशबंधू नाटक मंडळांतले अनंत वाटवे हाच्या मार्गदर्शनाखाला राजाभाऊन 'स्वंयसेवक' नाटकाची निर्मिती केली. आनी ह्याच नाटकाक लागून 'उमाजी नाईक', 'माझी जमीन', 'करीन ती पूर्व', 'शारदा' सारख्या नाटकांची निर्मिती जाली. तशेंच 'जळता गोमंतक' ह्या नामनेच्या नाटकांत राजाभाऊचो हातभार आसलो.

१९४५ वर्सा, 'आजगांवकार दशावतार मंडळांत' 'रेणुकावध' ह्या आख्यानांत सादर केल्ल्या भार्गवच्या भुमिकेंतल्यान राजाभाऊच्या दशावतारी कलाकाराची सुरवात जाली.

१९५४ च्या काळांत 'आजगांवकार दशावतारी मंडळ' बंद पडून परत १९५५ वर्सा मंडळांतलेमालक

दत्ताराम चंद्रोजी आजगांवकर हाणें. कृष्णा तेली मास्तर, यशवंत वाजंत्री आनी राजाभाऊच्या सहभागांत १७ ते १८ वर्सामेरेन ही कंपनी चलयली. त्याच काळांत, १९६० त अखिल भारतीय लोककला महोत्सवांत, महाराष्ट्र राज्य सांस्कृतीक संचालनालयाकडल्यान आमंत्रण आशिल्ल्यान मुंबयच्या रंगभवनांत 'गौरीभिषण' ह्या आख्यानाचेर ताणें प्रयोग केल्ले.

१९६१ च्या काळांत, राजाभाऊन शिरोडेच्या नामदेव नायक हांच्या थिएटरांत 'भीष्मप्रतिज्ञा' नांवाचो दशावतारी खेळ सादर केल्लो.

१९७७ त, 'नाट्यदर्शन – सावंतवाडी'च्या फुडारान दशावतार कलाकार – मालक संघटनेचे सचिव म्हण निवडून हाडिल्लो. राजाभाऊन मोचेमाडकार, आरोलकार, चेंदवणकार अशा दशावतार मंडळांतल्यान भुमिका केल्ल्यो त्यो म्हळ्यार, वस्त्रहरणांत शकुनी, कर्णवधात शल्य, अश्वमेधात अर्जून, कीचकवधात कीचक, रामायणांत केन्ना बिभीषण तर केन्ना रावण तशेंच नारदाची भुमिका करताले.

२९ एप्रील, १९९५ वर्सा नामनेचे साहित्यीक – कलावंत, यक्षगानाचे अभ्यासक, तशेंच ज्ञानपीठ पुरस्काराचे मानकरी कै. डॉ. शिवराम कारंत हांच्या उपस्थितींत सावंतवाडीत जाल्ल्या 'यक्षगान आनी दशावतार' ह्या विशयावेल्या परिसंवादांत राजाभाऊन वक्ते म्हण भाग घेतिल्लो.

राजाभाऊन दशावतारा संबंधी लेखांच्या रुपांत बरेंच लेखन केला. दशावतराच्या पुर्वरंगासंबंदीत ताणें बरयिल्या लेखांचो संग्रह उजवाडाक आयला.

१९७८ वर्सा, सावंतवाडीत जाल्या ५९ व्या अखिल भारतीय मराठी नाट्यसंमेलनांत ताचो भोवमान केल्लो.

वेंगुर्ला हांगा घेतिल्ल्या दशावतारी नाट्य सर्तींत राजाभाऊक दुसरें इनाम फाव जाले. तशेंच कै. बॅ. नाथ पै सेवागंण मालवण हांच्या संस्थेवतीन दिवपाचो बहुमानाचो पुरस्कार राजाभाऊक प्राप्त जाल्लो.

– **सं. मं.**

आजगो : पळयात : भात

आझाद गोमंतक दल : सशस्त्र झुजाऱ्यांचो एक पंगड. १९४७ वर्सा सुभाषचंद्र बोसच्या 'आझाद हिंद फौज' हातुंतल्यान स्फूर्त घेवन ह्या संघटनेची थापणूक जाली.

भारतांतल्यो पोर्तुगेज वसाहती सोडचे खातीर, डॉ. राम मनोहर लोहिया हाणें गोंयांत कायदेभंगाची सत्याग्रही चळवळ सुरू केली. शस्त्राचो वापर केलेबगर पोर्तुगेज गोंय सोडून वचचें ना देखून, २३ एप्रील १९४७ ह्या वर्सा पोर्तुगेज राजवटी आड सशस्त्र झूज दिवपाक एक संघटना निर्माण करपाचें थारायलें. तेन्नाच 'आझाद गोमंतक दल' हें क्रांतिकारांक संघटनेची बुन्याद घडली.

एक्र खडेगांठ ४० तरणाट्यांचो सशस्त्र पंगड तयार जालो. पोर्तुगेज लश्करी शक्तिचो कणो मोडून उडोवचे खातीर कांय येवजण्यो आंखल्यो, ऑगस्ट १९५४ च्या दुसऱ्या सप्तकांत दादरा नगर हवेलीचेर हल्लो करपाचें थारायलें. २ ऑगस्ट १९५४ दिसा सिल्व्हासा शाराची सुटका केली.

आझाद गोमंतक दलाचे वावुरपी पोर्तुगेजाआड बरेंच तापिल्ले ते पळोवन पोर्तुगेजांनीय आपल्या

सैन्याचें आधुनिकीकरण केलें आनी आपलो प्रतिकार वाडयलो. ताका लागून दल संघटनेच्या वावुरप्यांनी आनीकय वांगडी घेवन तांका प्रशिक्षण दिवपाखातीर शिबिरां घेतलीं. ऑगस्ट १९५६ मेरेन दोनशें चाळीस झुजारी तयार जाले आनी तांकां गोंयांत तशेंच दमणांत वेगवेगळ्या वाठारांनी नेमले. तांचो ऐकामेकालागीं संबंध उरचो म्हूण आरोंदे, सातार्डे, बांदा, वजरें, तेरेखोल, कणकुंबी, कॅसलरॉक, कुमठा हांगा संपर्क केंद्रां चलतालीं.

१९५४ वर्सा दलाच्या कार्यकर्त्यांनी सरकारी ठाण्यांचेर हल्ले करपाचें थारायलें. तेप्रमाण पोलीस ठाण्याचेर हल्लो करून आर्विल्या, शास्त्रांचो साठो जप्त करपाच्या कामाखातीर वावुरप्यांक नेमलें.

जानेवारी १९५५ ते मे १९५५ मेरेन ताणें पोर्तुगेजांच्या आर्विल्या शस्त्रांचेर आनी दारू गुळ्याचेर जायत्यो घुरयो घाल्यो. इतलेंच न्हय गोमंतक दलाच्या वांगड्यानी मिलिटरी जिपीक उजो घातलो. पोर्तुगेज अधिकाऱ्यांक गुळी घालप, सरकारी मालमत्ता नश्ट करप, बाँब फोडप ह्या सारक्यो धाडसी वावर हातांत घेवन आपले परीन सरकारी प्रशासनाक आडखळ हाडपाचो यत्न केलो.

गोमंतक दलाच्या वांगड्याक प्रशिक्षण दिवपाखातीर जीं शिबिरां घेतिल्लीं तातूंत पुण्याचो कॅप्टन डी. जी. गोळे, दिल्लीचो कर्नर शेर जंग चौधरी ह्या अणभवी लस्करी ऑफिसरांच्या मार्गदर्शनाखाला ही शिबिरां चलतालीं.

आझाद गोमंतक दलाचे मुखेल कार्यकर्ते, प्रभाकर विठ्ठल सिनारी (उत्तरेक) आनी प्रभाकर त्रिविक्रिम वैद्य (दक्षिणेक) आशिल्ले. तशेंच शिबिरांत आशिल्या वांगड्यांक वेगवेगळ्या विशयांचे गिन्यान दिवपाखातीर श्यामराव लाड, झोटिको पी. द. सौझ आनी महाबळेश्वर नायक हाणें कार्यशाळा घेतल्यो.

गोमंतक दलाचे झुजारी वेगवेगळ्या वाठारांनी नेमिल्ले. ताका लागून ऐकामेकाकडेन संबंद उरचो म्हण यशवंत नागडे, पुरुषोत्तम कवळेकार, सुर्यकांत नायक, रंगा नायक, आत्माराम मयेकार, कृष्णा मयेकार, कृष्णराव राणे, टोनी फेर्नांडीस, दत्ताराम देसाय, भिकुबाय पांडे आनी जगन्नाथ त्रिपाठी, विश्वनाथ लवंदे हांच्या संपर्काखाला हीं केंद्रां चलतालीं.

पोर्तुगिजांआड दलाच्या वावुरप्यांनी कांय मुखेल अश्यो घुरयो घातिल्यो. त्यो म्हळ्यार १ जानेवारी १९५५, बाणास्तरी – पोलीस ठामे – मोहन रानडे, ९ फेब्रुवारी १९५५, गुळेली पोलीस ठाणे – कृष्णा मयेंकार आनी कृष्णराव राणे, ११ फेब्रुवारी १९५५, अस्नोडा – कानोबा नायक, १२ फेब्रुवारी १९५५, काणकोण – दत्ताराम देसाय आनी प्रभाकर वैद्य, १२ मार्च १९५५, कळंगूट पोलीस ठाणे – यशवंत अगरवाडेकर, १९ फेब्रुवारी १९५५, रावण लश्करी ठाणे – प्रभाकर सिनारी, १ एप्रील १९५५, हळदोणा पोलीस ठाणे – रामदास चाफाडकार आनी शंभू पालकार ह्या धाडसी हल्ल्यांवरवीं आझाद गोमंतक दल संघटनेक शस्त्रां आनी हेर संबंदीत उपकरणां मेळ्ळीच, पूण हांचेपरसूय व्हड हल्ले करपाचें तांकां बळ आयलें. ह्या वावरांत कुलदीपसिंग, केदार आणवेकार, वसंत चोडणकार, मनोहर पेडणेकार, बाळकृष्ण भोंसले आनी बापू सहकारी हांणी व्हड कामगिरी केली.

गोमंतक दल हे संघटनेन गोंयची सुटका जायमेरेन हार मानली ना.. अखेर मेरेन आपलो वावर चालूच दवरलो. सुटकेच्या इतिहासांत, आझाद गोमंतक दलान, आपल्या क्रांतिकारी कार्यान आपणाखातीर एक खाशेली सुवात निर्माण केली. सुटकेउप्रांत ॲड.

विश्वनाथ लवंदे हाच्या मार्गदर्शनाखाला, 'आझाद गोमंतक दल' ही वास्तू दलाच्या कार्याचें आनी ह्या कार्यात हौताम्य पत्करिल्याचें स्मारक म्हणून पर्वरी-गोंय हांगा उबी आसा.

– सं. मं.

आजूत (एनिमा) : सदूळपणान हागपाक सोपें जावचें म्हणून वापरांत आशिल्ली एक गांवठी उपचार पद्दत. कांय कारणांक लागून कांय जाणांक सडसडीत हागपाक जायना. कांय जाणाच्या पोटांत मळाची खडी जाता. अशावेळार मनशाच्या पोटांत वळटा, पोटांत फागूर मारता, अस्वस्थपण येता, तो पयस करपाक आजुताचो उपचार बऱ्याक पडटा.

सुमार दोन लिटर उदक उरता अशे तरेचें धातुचे उबें आयदन. ताचे सकयले वटेन (तळाक) एक तोटी. वयल्या तोंडाकडेन आयदन हुमकळवपाखातीर एक दोरयेची कोंयडी.तोटयेर एका तोंकांतल्यान चडयल्ली, रबरी वादी (पायप) आनी वादयेच्या दुसऱ्या तोंकाक उत्ती – बंद करूं येता अशी चावी आशिल्ली एक पींय. गरम उदक करून आयदनांत भरता. कांयवेळा ह्या उदकांत हींग वा बडीशेप चड परिणाम मेळपाक घालता. उदक नेटान पोटांत वचचें म्हणून आयदन एके उंचायेर हुमकळटा. वादयेची पी आजूत घेतल्याचे गांडींत घालून ताची चावी सदळ केली म्हणटकीर आयदनांतले उदक वादयेंतल्यान देवून पियेंतल्यान मनशाच्या पोटांत नेटान वता आनी आंतड्यांनी दसून उरिल्ले वा घट्ट जाल्लो मळ, उदकान भिजून मोव जाता, आनी उदका वांगडा भायर सरता.

बाळटेरावेळार भुरगें भायर सरपाक सोपें जावचें ह्या उद्देशान गुरवार बायलेक आजूत दिवन तिचें पोट साफ करून घेता. तेचप्रमाण वेणो येता तेन्ना जावपी कुडिचे हालचालिंतल्यान ते बायलेचें हागप जावचें न्ही होय थंय उद्देश आसता.

आदल्या तेंपार घरच्या सगळ्या मनशांक नेमान आजूत घेवपाची सवंय आसली. आनी म्हणून त्या काळांत आजूत ही वस्त दर घरांत आसतालीच. विशेश करून जाण्टच्यां मनशांखातीर ती सामकी आवश्यक जाताली.



हेर गांवठी उपचारासारकी आजूत हीय उपचार पद्दत आतां घरांनी दिसना. ताचे सुवातेर लोक आतां गुळयो, पिल्लां घेवन काम भागयता. तरीय आजय हॉस्पिटलांनी बाळंटेरा वेळार, गुरवार बायलेक आजूत (एनिमा) दितातच. आजूत तयार करप आनी तें घेवप ह्यो क्रिया वेळ खायऱ्यो आशिल्ल्यान आयच्या काळांत त्यो काळाभायऱ्यो जाल्या आसूं येता.

– डॉ. भिकाजी घाणेकार

आझुलेजू (तिजुले) – चित्रकला : चकचकीत (glazed) तिजुल्यांचेर हातान पितरायल्ली चित्रकला. ह्या चित्रकला – प्रकारांत, ल्हान ल्हान तिजुले घेवन, तांचेर ते एकत्रीतपणान सलगतायेन, वण्टीर मांडटकीर, एक पुराय कलाकृती तयार जातली, अशे पद्धतीन रंगकाम करता. म्हणजे दर एका तिजुल्याचेर कलाकृतिचो ल्हानसो अंश उरता. सगळे तिजुले सलगरितीन वण्टीर मांडले म्हणटकीर, हे मांडावळिंतल्यान एक पुराय चित्र उबें रावता. निखटे वण्टीर चित्र काडटल्या चित्रकाराक, पुराय चित्राखातीर लागपी सुवात एकेचकडेन मेळटा. आझुलेजू चित्रकला प्रकारांत अशी सुवात उपलब्ध जायना. ते खातीर ताका एका ल्हानशा तिजुल्याचे वांट्याक आयिल्लो कलाकृतिचो ल्हानसो भाग पितरावचो लागता. अशें करताना, अशे ल्हान ल्हान भाग मेळून फुडे एकत्रीतपणान सबंध चित्र जुस्ताक ज्युस्त उबें रावतलें हाचें भान दवरचें लागता.

हो चित्रकला प्रकार पुर्तुगिजांनी गोंयांत हाडलो आसलो तरी तो पुर्तुगालान अरबांकडल्यान घेतिल्लो. कांय जाणकारांच्या मतान, अरबांनी ही कला पर्शियनांकडल्यान घेतिल्ली आनी पर्शियनांनी ती ख्रीस्त पूर्व काळांत एशिरियनांकडल्यान घेतिल्ली अशें जरी आसलें, तरी हे चित्रकलेचो युरोपांत मुखेलपणान सोळाव्या शेकड्यांत अरबांकडल्यान आठव्या शेकड्यांत प्रसार जालो. युरोपांत आनी हेरकडेन ही कला पावोवपाचें स्त्रय मात चडशें पुर्तुगालाक वता तांणी कलेंत सुधारणा करून तिका नवो रुपकारय दिलो. हे कलेंत सर्व सादारणपणान निळ्या रंगाच्या तिजुल्यांचेर धव्या रंगाच्यो आकृती काडप जाता. पुर्तुगीज भाशेंत निळ्या रंगांक 'आझुल' म्हणटात. ह्या आझुलावयल्यान ह्या कला प्रकारांत 'आझुलेजू' हें नांव पडला अशें दिसय समा आसा. पूण खरेपणीं 'आझुलेजू' हें उतर अरबी 'झेलीज' म्हणजे तुळतुळीत फातर (Polished Stone) ह्या अरबी उतरावयल्यान घडलां. आदीं हे चित्रकलेंत निळो आनी हळदुवो रंगाचो वापर जातालो आनी हे कलेवरवीं फुलांची मांडावळ वा धार्मीक विधीचें चित्रण जातालें. सतराव्या शेकड्याचे अखेरेक हातूंत बदल जावंन, निळे तिजुले आनी तांचेर धव्यो आकृती ही चिनी चित्रकलेची रंग – संगती 'आझुले जू' चित्रकलेंत आयली. पुर्तुगालांत जायत्या घरांच्या दर्शनी वण्टींचेर आनी इगर्जींच्या भितरल्या वण्टींचेर हे चित्रकलेचो अविश्कार पळोवंक मेळटा.

हे चित्रकलेक लागपी सिरेमीक तिजुले तयार करपाखातीर, फाव त्या आकाराचे चिनी मातयेचे चवकोनी कुडके १२०० अंश सें.ग्रे. उश्णतेखाला भाजून घेतात. उप्रांत तांकां चकाकी दिवन, तांचेर रंगकाम करतात. ते जातकीर तिजुल्यांत रंगाची वेवस्थीत भरसण जावंचेखातीर पर्थून १२०० अंश सें. ग्रे. उश्णते खाला भाजतात.

गोंयांत ही चित्रकला पुर्तुगिजांनी हाडली. गोंयांत हे कलेखातीर खास पुर्तुगाली शैलींत, धव्या तिजुल्यांचेर निळ्यो आकृती काडप जाल्या. गोंयच्या बऱ्याच ख्रिश्चन घरांतल्या दर्शनी वण्टींचेर ह्यो कलाकृती दिसतात. तशेंच ऑल्ड गोंयची इगर्ज, चिंचणीची इगर्ज आनी पणजेच्या इन्स्टिट्यूट मिनेझीस ब्रागांझा इमारतीच्या प्रवेशदाराभितरल्या वण्टीचेर हे कलेचे कलात्मक नमुने पळोवंक मेळटा. इन्स्टिट्यूट मिनेझीस इमारतींतली कलाकृती जॉर्ज कुलासो ह्या चित्रकाराची आसून तातूंत, पुर्तुगीज म्हाकवी लुईज वाज द कामोईस हाणें बरयल्ल्या, ऊश लु जियादस



इन्स्टिटयूट मिनेझीस ब्रागांझ इमारतीच्या प्रवेशद्वारा भितरल्या वण्टी वयली आझुलेजू (तिजुले) चित्रकला

ह्या पुर्तुगीज म्हाकाव्यांतले प्रसंग पितरायल्ले आसात. आधुनीक काळांत, आदली कळाशी वापरून आझुले जू पद्दतिची चित्रकला पितरायल्ले. विविध रंगांतले तिजुले तयार करपाचो ल्हान प्रमाणांतलो उद्योग गोंयांत चलता. ह्या तिजुल्यांचेर गोंयची कला, संस्कृताय आनी सैम पितरावप जाता जाल्ल्यान, पर्यटकांकडल्यान अशा कलाकृतींक मागणी आसता. गोंयांतल्या मुखेल शारांनी अशे तिजुले विक्रेखातीर उपलब्ध आसात. पुर्तुगिजांनी गोंयांत हाडिल्ली ही कला आतां गोंयची कला जाल्या.

– सं. मं.

आटवल (पोंगुलु) : उकडे तांदूळ (गांवठी, पूण तांबडे घेतल्यार चड बरे), मेथी, गोड, सोय आनी मीठ घालून केल्ल्या ह्या पदार्थाक आटवल अशें म्हणटात.

कांयकडेन आटवलांत मूग घालतात. दोन कुलेरां मेथी रातची भिजत घालची. दुसरे दीस सकाळी आयदनांत उदक घालून गॅसार दवरचें. उदकाक खतखतो येतकच तांतूंत मेथी घालची. ही मेथी धा मिनटां शिजोवची. पंदरा ते वीस मिनटां पयलीं तांदूळ आनी मूग बरे धुवून घेवचे. मेथी शिजतकच धुवून घेतिल्लें तांदूळ आनी मूग घालचे. एक खतखतो

आयल्या उपरांत गॅस मंद दवरचो. तांदूळ मोवसार शिजोवन घेंवचें. (तांदूळ शिजोवपाक व्हड आयदन घेवचें. मर्दीं मर्दीं आयदनांत उदक आसा काय ना तें पळोवचें. उदक कमी जाल्यार. आनी इल्ले उदक ओतचें. तांदूळ शिजतना पोंदाक लागूंक फावना हाची खात्री घेवची. नाजाल्यार करपल्ल्याचो वास येतलो) पाऊण वाटी सोय थोड्या उदकांत बारीक वाटून घेवची. ताचो दाट रोस वेगळो आनी पातळ रोस वेगळो काडून घेवचो शिजिल्ल्या तांदळांत पातळ रोस, मीठ आनी देड वाटी गोड घालचें मात्सो खतखतो येतकच दाट रोस तातूंत घालचों आनी धवळचें. मातसो खतखतो येतनाच गॅस बंद करचो. सोयिचो रोस करिनासतांना निखटी सोय घालूनय आटवल करूं येता.

आटवल चड पातळ करचें न्ही. आटवल एका ताटांत वा पाटार पातळावन, थोडे वेळ सुकल्या उप्रांत, सुरयेन ताचीं कापां करूनच खांव येता. शिरवणांतल्या एका आयतराक आटवलाचो निवेद दाखयता.

– सं. मं.

आटी : एक भांगराची वस्त (दागिनो). ही वस्त बायलां माथ्यावयल्या केंसांच्या आंबाड्या भोवतणी घालतात. जशी आंब्याड्या भोवतणी फुलांची फाती वा आटी माळटा तशी ही वस्त घालची आसता. ही आटी मोगऱ्यां फुलांची, शेंवत्या फुलांची, चाफ्या फुलांची, सुरंगां फुलांची वा तत्सम फुलांची प्रतिकृती आसता आनी तिका आंबाड्या भोवतणी बसोवपाखातीर दांतयारे हूक आसता.

खऱ्या फुलांचे अशे रचणुकीकय आटी (फाती) म्हणटात. विशेश करून मोगऱ्यां फुलांचे फातयेक आटी म्हणटात. सुरंगां आनी आबोल्या फुलांचे फातयेक वळेसर म्हणटात. वोंवळाचे फातयेक आनी जायांचे फातयेक पोड म्हणटात. कांय कडेन फातयेक पटी म्हणटात.

– सं. मं.

आठ पांयांचो : पळयात : कापडयो

आडकी : (मराठी – सर्पगंधा, हिंदी : छोटा चांद, संस्कृत : चंद्रिका, लॅटीन : राउवोल्फिया सेर्पेंटिना.)

वखदी वनस्पत. ३०–७५ सेंमी उंचाय आशिल्ली आनी सरळ उबी वाड जावपी ही वनस्पत. ८–२० सेंमी लांबायेची पानां तर १.५ सेंमी लांबायेची फुलां फुलतात. धवीं आनी लेंव गुलाबी, पुष्पबंधाक्ष गाड तांबडो, ल्हान घोंसांवरीं, ल्हान फळां. हीं फळां आकारान गोल. तीं पिकल्या उपरांत गाड जांबळी वा काळपट जाता. गोंयांत कांय सुवातिंनी ही वनस्पत सापडटात. मैदानी सपाट अशा सुवातिंचेर दोंगुल्यांनी ही वनस्पत पळोवंक मेळटा.

तकली फोडप, घाम येवप, दोळ्यांमुखार धयरें दिसप अशीं लक्षणां पिडेकारांमदीं दिसून आयल्यार अडकेच्या मुळांचो थोडो पिठो पोटांत घेतात. मल्लूक मारून येवप तशेंच मानसीक विकार आसल्यार आडकेचो पिठो पोटांत घेतात. आडकेचो पिठो थोड्या प्रमाणांत घेत जाल्यार बुद्दीक चालना मेळून बळ प्राप्त जाता. बायलांक म्हयन्याचे पाळयेवेळार त्रास जायत जाल्यार ह्या पिठाचो वापर जाता. जिवाणें

वा हेर कसलोय विखारी जीव चाबून त्या भागार सूज आयल्यार मुळावो उपचार म्हूण आडकेचें मूळ झरोवन पोटांत घेतात.

– सं. मं.

आडसर (सिंयाळें) : नाल्ल ह्या फळांचे तन्रे अवस्थेक आडसर म्हणतात. बोणो, आडसर आनी नाल्ल ह्या तीन अवस्थां मर्दी आडसर ही मदली अवस्था. नाल्ल जून जावचे पयलिची ही अवस्था. हें अवस्थेंत नाल्लाची सोण्णां, कातली आनी उदक आपले तन्रे अवस्थेत आसता. माडाक पोंय फुटले उपरांत साधारणपणान दोन म्हयन्यांनी नाल्ल आडसर अवस्थेंत पावता आनी साधारण एक म्हयनो हे अवस्थेंत रावल्या उपरांत जून नाल्लाचें अवस्थेंत वता. आडसर अवस्थेंतल्या नाल्लाच्या सोण्णांचो रंग पांचवो आसता आनी सोण्णाचो काथो मोव आसता. नाल्लाची कट्टी तशी कातली दोनी मोव आसता. नाल्ल भर उदक आसता. आडसराची मोव कातली आनी उदक रुचकर आशिल्ल्यान लोक ते पसंत करता. पर्यटन थळांनी आडसरां विकपाचो वेवसाय हे खातीर मोठ्या प्रमाणांत चलता. तशेंच कांय पिडांनी (लिवराची पिडा) हलको आहार म्हणून आडसराची कातली आनी उदक दिता. उपासाचो आहार म्हणूनय आडसराची कातली आनी उदक घेता. कर्नाटकांतल्या मुलकी गावांतल्या श्री नृसिंह देवाच्या स्थापने दिसा (मार्गशिर्श पुनवेक), दर वर्सा व्हड उत्सव जाता. त्या उत्सवांत एक दीस देवाक २५,००० परस चड आडसरांच्या उदकाचो अभिशेक घालता. तुळाभार (मनशाच्या वजना इतक्यो वस्ती एका दाल्यांत आनी मनीस एका दाल्यांत) आंगवण



पावयताना मनशाच्या वजनाइतल्यो वस्ती (नाल्ल, साखर, फळां, धान्य आनी हेर) वायरतात तांचेमर्दी आडसरांचोय आस्पाव आसता.

पूरक नोंद १) नाल्ल २) माड.

– सं. मं.

आडांबो : दाराक भितरल्यान घालपाची लाकडी खिळी. आदल्या काळांत आधुनीक खिळयो, कुलपां येवचे पयलीं, दार भितरल्यान बंद करपाक अशा आडांब्याचो उपेग करताले. आधुनीक कुलपां, खिळयो ह्यो दार आनी दरवज (दाराची चवकट) हांकां जोडलेल्यो आसता. आडांबो हो दार वा दरवाजाक बसयनासताना तो दाराचे वणटीक भितरल्यान बसयताले. दाराचे वण्टीक दोनयवट्यां दोन बुराक करताले. एकेवटेनचो बुराक लांबायेन दाराचे रुंदाये परस चार – पांच इंच व्हड तर दुसरे वटेनचो फकत चार–पांच इंच लांब. दोनय बुरकांची घेराय सुमार ३ ते

४ इंच व्हडलांबायेच्या बुरकान ३ ते ४ इंच जाडयेचो चवकोनी, सरळ आनी सुळसुळीत दाराचे रुंदायेपरस चार – पांच इंच व्हड लाकडाची कांब दवरताले. दार बंद करून ही लाकडाची कांबा लांब बुरकांतल्यान ओडून ताचें दुसरें तोंक ३ ते ४ इंच लांबायेच्या दुसऱ्या बुराकान दवरताले. अशें केल्ल्यान दारा फाटल्यान दार भर दाराक त्या लाकडाच्या कांबिचो आदार मेळटालो. आनी कोणेय दार भायल्यान भितर धुकल्लें तर तें भितरल्यान उक्तें जाय नासलें. दार उक्तें करपाचें आसताले तेन्ना लाकडाची कांब पर्थून ल्हान बुरका कडसून व्हडल्या बुरकांत व्हरून दवरली की दार उक्तें जावपाक मेकळीक मेळटाली.

आदल्या काळांतल्या अस्तित्वांत उरिल्ल्या घरांनी, वाड्यांनी अशे आडांबे आजय पळोवंक मेळटात.

– सं. मं.

आणुकल्यां माणकुल्यां खेळ : ल्हान भुरग्यांचो एक खेळ. ह्या खेळांत विशेश नेम वा तंत्रीक गजाली चडशो नासतात. ह्या खेळाक कसलेंच तरेचें साहित्य लागना. कमीत कमी ३–६ जाण भुरग्यांनी मेळून हो खेळ खेळूं येता. हो खेळ जरी ल्हान भुरग्यांचो आसलो तरी हातूंत नेणट्यां – जाणट्यांनी लेगीत वांटो घेवूं येता. हो खेळ घरांत, आंगणांत वा मेकळ्या सुवातेर खेळूं येता.

१) ह्या खेळाचे सुरवातेक भुरग्यांनी वाटकुळी बसपाची. 'हर हर बोटयो' करून जमनीर हात पसरावपाचे. मागीर एकट्यान कोणेय, दर एक हाताचें बोट मेजीत म्हणप :

"आणकु – माणकुल्यो सवण माणकुल्यो कुर्कुटांत माजर बसलां, पेज कर गो माजरा शिरोडेची कायल, बांदोडेचो दवलो. कोणाक जाय धुमको, चिमटो कूय करा."

(निमण्याच्या हाताक चिमटो काडप)

२) मागीर हात फाटल्यान फुडल्यान व्हरून म्हणप :

"हें पळय म्हजें हात
देवान दिलें भात..."

३) पांयांच्या पावलार पावल्यो, वा हातार हात दवरून वाटकुळीं बसप, आनी एकट्यान आरतो, परतो हाताचो तळवो करीत गावप :

"आप्पड पाप्पड चेंबू लाडू, दाकोजीचें एक पान, धर गो बिबें म्हजो खांद.
केंव मेंव घरे खांव
पातोळेंचे उदक पियेवं
कुतुल्यो, कुतुल्यो, कुतुल्यो..." अशें

म्हणत एकामेकांक कातकुतल्यो करप. ह्या कातकुतल्यांनीं पोट फुटसर हासूंकय मेळटा.

कांय वर्सां आदीं हो खेळ भुरगीं खेळटालीं गांवांगांवांनी तर ताच्यो वेगवेगळ्यो परी पळोवंक मेळटाल्यो. हालिंसरां हातुंतले बरेच खेळ भुरगीं विसरल्यात.

– सं. मं.

आणो : पळयात : अधेली

आदमां : एक व्हड रूख. आंबो आनी पणसा रूखासशा रकोचहरहो रूख आकारान आनी आवाठान तितकोच व्हड आसता. आदमाच्या 'आदम' म्हणटात. तिका कुचकुचीत आदमां (फळां) जातात. आदमांचो आवाठ सारको मुंबयच्या बोरावरी

लांबसो वांटकुळसार आसता. आदमां खावपाक गोड, आंबट आनी मोंव आसतात. तांचो गोक्षरोप चिकूभशेन आसता. फळांत भिंतर दोन-तीन बियो आसतात. कोंकणात चडशा वाठारांनी हो रूख पळोवंक मेळटा.

– सं. मं.



आपटो : (मराठी - आपटा, वनराज, कांचन, हिंदी - अष्टा, गुरीयाल, कचनाल, कन्नड - बण्णे, लॅटीन - बॉहीनिया रॅसिमोजा, कूळ - लेग्युमिनीजी)

हें झाड कांचन, रक्तकांचन आदींच्या वंशातलें आसून अशोक, अंजन, हांच्या उपकुलांत (सीसॅल्पिनि ऑइडी) ताचो आस्पाव जाता. हें ल्हान झाड वांकडेंतिकडें वाडटा. श्रीलंका, चीन, भारत आदी देशांतल्या सगळ्या वाठारांतल्या रानांनी हें झाड सापडटा.

बौहीन नांवाच्या दोन वनस्पती वैज्ञानीक भावांच्या (झां गास्पार) नांवावेल्यान ह्या झाडाक बौहोनिया हें वंशवाचक लॅटीन नांव दिलां.

आपटयाच्या झाडाक अर्दकुटी विभागिल्लीं, सादीं, रुंदायेन व्हड, वयल्यान पाचवीं आनी पोंदच्यान लेव पाचवीं पानां आसतात. जून ते मार्च म्हयन्यांत ल्हान, धवीं वा हळडुवीं फुलां येतात. ताका लांब सादारण चेपट्यो आनी वांकड्यो सांगो येवन तातूंत १२ ते २० चेपट्यो, वांटकुळ्यो बियो आसतात.

हिंदू समाजांत 'दसऱ्या' दिसा आपट्याची पानां एकामेकांक दिवपाची धर्मीक रीत आसा. 'दसऱ्याचे भांगर' म्हण ह्या पानांक पवीत्र मानूंक सांबाळून दवरतात. हीं पानां म्हळ्यार भांगर समजुचें असो तांचेमदीं भावार्थ आसा. आदल्या काळांत दसऱ्या दिसा खरेपणींच भांगराचें वांटप जातालें. उपरांत खऱ्याखुऱ्या भांगरा जाग्यार भांगराचें नांव (कांचन) आशिल्ल्यान आपट्या रुखाचीं पानां वांटपाचीं पद्धत आयल्या आसूंये.

आपट्याचें झाड तशें वखदीय आसा. नाळगूद रोगाचेर आपट्याचे सालिचो रोस काडून पिवपाक दितात नाजाल्यार, आपट्याचो पालो, खरवतिचीं पानां आनी माका एकठांय वांटून रोस काडटात आनी तातूंत कुड्याचें मूळ उकडून दितात. भुरग्यांक जावपी 'आगपैणी' (impetigo contugiosa) ह्या दुयेंसाचेर आपट्याचो पालो धंयांत वांटून लायतात. हे वैजकी उपचार करताना जाणकाराचे बुद्दीन करपाची

जतनाय घेवचीं.

आपट्याचे सालिपसून टॅनीन, धागे, आनी गोम मेळटा. 'आपटो' ह्या नांवाची कांचनाची आनीक एक जात (बौहीनिया टोमेटोजा) रानांनी आनी पोरसांत दिश्टी पडटा. तिका हळडुवो कांचन म्हणटात.

– सं. मं.

आपालिपा : आदल्या तेंपावयलो एक सोपोसो खेळ.

ह्या खेळाक कांय कडेन 'लपालिपी' अशेंय म्हणटात. कांय जाण 'दाखय लिपय' अशेंय म्हणटात. तेचवरीं खंय खंय 'आसपास' म्हणूनय हो खेळ खेळिल्लो पळोवंक मेळटा. ह्या खेळाचीं नांवां वेगवेगळीं तशेंच हो खेळपय दोन तरांनी जाता. एके तरेच्या खेळांत 'बेबो' जावपाच्या दोळ्यांक बांददतात आनी दुसऱ्या तरेच्या खेळांत 'बेबो' जावपी फाट करून दोळे बंद करून उबो रावता.

१) साहित्य : ह्या खेळांत दोळ्यांक बांदपा पुरतो लेंस सोडल्यार हेर साहित्य लागना.

२) खेळाचो प्रकार : हो खेळ पंगडांतच खेळटात. मैदानार वा घरांत खेळपाचो हो खेळ चले वा चलयो खेळटात. पावशी दीस सोडून हेर दिसांनीं हो खेळ खेळटात. ५ ते १२ वर्सां मेरेन वयाचे चले / चलयो हो खेळ सोयी प्रमाण खेळटात.

३) नेम आनी अटी : 'बेबो' जाल्यार दोळ्यांक लेस बांदप.

४) खेळपाची पद्धत / रीत : सुरवातेक बेबो सोदून काडपाक जितले वांगडी आसतात तांचेर १०, २०, ३० ते १०० मेजतात. जाचेर १०० येता तो कडेक रावता. उरिल्ले परत मेजतात. अशें करून शेवटाक जो उरता ताका 'बेबो' करून ताज्या दोळ्यांक लेस बांदतात.

'बेबो' जाल्लो मागीर सांसपीत सांसपीत हेर वांगड्यांक हात लावंक करता. खंयच्याय वांगड्याक हात लागलो जाल्यार 'बेब्यान' ताचें नांव सांगचें पडटा. जर नांव सारकें जालें तर जाका हात लागला तो 'बेबो' जाता. नांव जर चुकिचें सांगलें तर आसा तोच 'बेबो' उरता. उपरांत तो परत यत्न करता.

कांयकडेन नांव सांगपाची सक्ती आसना. 'बेबो' जावपाक फकत हात लायल्यार पुरो जाता.

लेस बांदिनासतना खेळटात थंय 'बेबो' एका ल्हानशा वर्तुळांत उबो रावता, आनी पद म्हणटा. 'कोणी तरी यावें, टिचकी मारून जावें.' ह्या वेळार तो दोळे बंद करून सगळ्या वांगड्यांक फाट करून उबो रावता. ताणें पद म्हणकीर बाकिच्या वांगड्यां मदलो कोणय एकटो ताचे तकलेर चापटी मारून जाग्यार वता.

तेन्ना बेब्यान चापटी मारिल्याचें नांव सारकें सांगूंक जाय. सांगिल्लें नांव सारकें जालें जाल्यार चापटी मारपी 'बेबो' जाता. नाजाल्यार आदल्याचेरच बेबेपण उरता. उपरांत दुसरो वांगडी ताचें तकलेर चापटी मारून वता. तो नांव सांगता. अशे करून खेळ मुखार खेळटात.

कर्नाटकाच्या उत्तरेकडल्या राज्यांनी – कारवार, मंगळूर वाठारांत हो खेळ खेळटात. तशेंच महाराष्ट्राच्या कोंकणी वाठारांत आनी शाळा, हायस्कुलांनी हो खेळ खेळिल्लो पळोवंक मेळटा.

फायदो : दोळे बंद करून आवाजान पारखूक येता. २) काळखांत सांसपून चलपाचो सराव जाता. ३) सांघिक भावना वाडीक लागता.

– एन्. सुहास

आबे फारिया : (जुजे कुस्तोदियु दी फारिया) : (जल्म ३० मे १७४६ कांदोळी – गोंय, मरण २० सप्टेंबर १८१९ पॅरीस)

संमोहन – विद्येचो जनक. ताचें मूळ नांव जुजे कुस्तोदियु दी फारिया. पूण ताका आबे फारिया म्हणूनच संसार वळखता. पुर्तुगीज उतर आबे (abbe) म्हणजे मठाधीश (abbot) हें नांव ताका ताच्या धर्मगुरूच्या कार्यावयल्यान पडलें. ताच्या बापायचें नांव कायतान वितोरिनु दी फारिया. आवयचें नांव रोज मारिया दी सौझ. कोलवाळचो पुर्वज अंतु शणै हो हिंदू सारस्वत ब्राम्हण आसलो आनी तो १६ व्या शेंकड्यांतले बाटाबाटींत किरिस्तांव जाल्लो अशें समजता. म्हत्त्वाकांक्षी कायतान आपल्या पुताक जुजेक घेवन, २३ डिसेंबर १७७१ ह्या दिसा लिस्बनाक पावलो. वर्सा उप्रांत पुर्तुगालचो राजा जोसेफ – १ फुडल्या शिक्षणाखातीर रोमाक गेलो. थंय कायतानान धर्मशास्त्रांतले डॉक्टरेटिचो आनी जुजेन पाद्रीपणाचें शिक्षण घेतलें. उप्रांत ताणें डॉक्टरेट केली. ती ताणें पुर्तुगालची राणी मेरी – १ हिका अर्पण केली आनी 'हॉली स्पिरीट'चेर केल्ले संशोधन पोपाक अर्पण केले. पोपान जुजेक सिस्टीन कपेलांत मीस (सेर्मांव) सांगपाक आमंत्रीत केलो. स्वतः पोप त्या मिसाक हाजीर रावलो. ताची वार्ता पुर्तुगालचे राणयेच्या कानार वचून तिणेंय ताका आपल्या कपेलांत मीस सांगपाक आपयलो. थंय मुखार व्हड व्हड लोकांक पळोवन जुजे कडकडलो. ताचो ताळो सुकून गेल्ल्यान ताच्या तोंडांतल्यान उतरां सरना जाली. ताची ती अवस्था पळोवन मुखार बशिल्ल्या ताचो बापूय कोंकणींतल्यान फुतफुतलो "कातोर रे भाजी" बापायचीं उतरां कानार पडना फुडें, ताचो भंय वचून ताणें नेटान मीस सांगलें. बापायच्या उतरांनी गेल्ल्या ताच्या भंयान, ताचेंमदीं क्रांतीकारी बदल घडयलो. ताणें जोडिल्लें संमोहन शास्त्रांतले विद्येचो संबंध हे घडणुकेंतल्या अणभवाकडेन खंयतरी लागता आसुंये.

१७८७ तल्या गोंयच्या पिंटो बंडाचो परिणाम म्हणून लिस्बन सोडून तो १७८८ त पॅरिसाक गेलो. थंय ताणे १७९५ त एका क्रांतीकारी गटाचें फुडारीपण करून फ्रेंच प्रथेआड बंड केले. १७९७ त ताका खबर नाशिल्ल्या कारणाखातीर अटक करून मार्सेलच्या किल्ल्यांत बंदीवान केलो. हांगा बंदखणींत आसताना ताणें आप–सुचोवणेचो प्रयोग आपणाचेर करून संमोहन – शास्त्राचो आनी प्रयोगाचो सराव केलो. बंदणिंतल्यान भायर येतकीर तो पर्थून पॅरिसाक गेलो. १८११ त ताका नीमीश हांगच्या फ्रान्स युनिव्हर्सिटींत तत्त्वगिन्यानाचो प्रोफेसर नेमलो. मार्सेलच्या 'सोसिएत मेडिकाल दी मार्सेल' हे संस्थेचो तो वांगडी जालो.

संमोहन शास्त्रांत क्रांतीकारी संशोधन करून त्या शास्त्राक नवो सिद्धांत ताणें दिलो. संमोहन शास्त्रांत प्रचलीत आशिल्ल्या फ्रांज आंतोन मेज्मर ह्या संमोहन – शास्त्राच्या पंडिताच्या सिद्धांतापरस वेगळो स्वतंत्र सिद्धांतच ताणें मांडलो. मेज्मर हाचो सिद्धांत मोनजात – चुंबकीय ह्या युरोपी तत्वार आसलो तर आबेन आपलो सिद्धांत सुचोवणेची शक्त ह्या पुर्वेकडल्या तत्त्वार आदारिल्लो.

आबे फारिया हाणे 'संमोहन भावना शक्त' ह्या भारतीय संमोहन शास्त्राचे संकल्पनेचेर आपलो सिद्धांत मांडून, दाखोवन दिलें की संमोहन करप्याकडसून संमोहन करतल्याचेर कसलें रसायन वचना, तर जाचेर संमोहन करप जाता ताच्या मनांतल्यानच निर्माण जाल्या कल्पनांचो (भावनांचो) ताचेर प्रभाव पडून तो संमोहीत जाता. तशेंच संमोहन हें जादू – टोणो

वा मंत्र-तंत्र अशा अमानवी अद्भूत शक्तीवरवीं नी जायना तर तें सैमीक करणांक लागून जाता हें ताणें सप्रयोग करून दाखयलें. आबे फारियान मांडिल्ल्या सिद्धांताक ताच्याच नुवान म्हणजे 'फारीइजम' (Farrism) म्हणून वळखतात.

ताणें Causas do Sono Lucido (on the Causes of Lucid Sleep) आनी Da Causa do sono Lucido no Estudo da Natureza do Homen (on the Cause of Lucid Sleep in the Study of Nature of Man) ही दोन पुस्तकां १८१९ त पॅरिसाक उजवाडायलीं.

आबे फारिया हाचो ब्राँझ पुतळो गोंयची राजधानी पणजी हांगा आसा. हो पुतळो गोंयचो एक शिल्पकार रामचंद्र पांडुरंग कामत हाणें १९४९ त तयार केल्लो. ह्या पुतळ्यांत आबे फारिया एके बायलेचें संमोहन करता असो देखावो आसा. आबे फारियाचे २५० वे जयंती निमतान पुर्तुगाल सरकारान ताचो फोटू घालून पोस्ट कार्ड काडिल्लें तो फोटू पणजेच्या ह्या पुतळ्याचो आसलो. मडगांवच्या (गोंय) एका रस्त्याक आबे फारियाचें नांव दिलां. आसीफ कुरीम भाय हाणें आपल्या "आबे फारिया" ह्या नाटकांत आबे फारिया हाच्या जिविताचें नाट्यमय दर्शन केलां. अलेक्झेंडर ड्युम्स हाची The Count of Monte Cristo (1841) कादंबरी आबे फारिया कार्यासंबंधी आसा. केरळची Institute of Clinical Hypnosis and Counselling ही संस्था आबे फारियाच्या उगडासाक ओंपल्या. दो यॅगश मुनीश हाणें O Padre Faria na Historia do Hipnotismo हें ताचें पुतुगीज भाशेंत चरित्र बरयला. ह्या पुस्तकाचो दो. पांडुरंग एस. बर्दे हाणे केल्लो कोंकणी अणकार १९८२ त प्रसिद्ध जाला. शणै गोंय बाब हाणेय "आबे फारिया" नांवाचें माणकुलें पुस्तक बरयलां.

एका अस्तुरीवयर संमोहन करताना दिसपी, पणजी (गोंय) शारांतलो आबे फारिया हाचो ब्राँझ पुतळो.

आबे फारिया हाणें मांडिल्ल्या सिद्धांताचेर पयलीं लोकांनी अविस्वास दाखयलो आनी टिका केली. ही विद्या म्हणजे अद्भूत विद्या थारावन धर्म संस्थानीय तिचेर बहिश्कार घालो. फारियाच्या निमण्यां दिसांनी तर फारियाचेर टिकेचो शिंवर जालो. ताचो अपमान करपी

लिखाण, व्यंगचित्रा प्रसिद्ध जाल्लीं. अखेरच्या दिसांनी तेखातीर तो थोडोसो खंतीन आनी एकांतवासांत जियेलो. पूण फुडाराक हे विद्येचो जो विकास जालो ताका फारियान मांडिल्ल्या सिद्धांताचोच आदार आसलो. आयचे घडयेकलेगीत ही विद्या फारियाचो सिद्धांत घेवन वाटचाल करता.

– सं. मं.

आबोली : (मराठी – अबोली, हिंदी – प्रियदर्श, कन्नड – अव्वोलिगा, संस्कृत – अम्लान, महासहा, लॅटीन – क्रॉसँड्रा इन्फंडिबुलिफॉर्मिस, क्रॉ – ॲड्युलिफोलिया, कूळ – ॲकँचेसी)

सुमार ६० सें. मी. उंच आसपी हे आंबोलीचे ल्हानशेंच रोप कितल्याश्याच वर्सा जगता. हें झाड मुळचें श्रीलंकेचें. मलायांत आनी भारतांत (उत्तर प्रदेश, अस्तंत बंगाल, अस्तंत भारत आनी गोंय) हें दिश्टी पडटा. ताची पानां सादीं, एकामेकांसामखार आनी गडद पाचव्या रंगाचीं आसतात. गंवाच्या कणसाभशेन पाचव्या कणसांत खांची – खांचींनी सोबीत आनी नाजूक लेव हळडुवीं वा केसरी फुलां येतात. हातूंत हेर प्रकारूय आसांत. सुक्या फळांत ४ बियो आसतात.

आबोलीच्या बियांपसून रोंपे काडून, कांडापसून कलमां करून वा ताळयो लावन नव्या झाडांची लागवड करतात. पावसाळ्यांत जमीन खणून, सारें घालून आनी सुमार ६० सेंमी. अंतर दवरून रोंपे लायतात. आबोलेची फुलां वर्सुयभर फुलतात. पूण ऑक्टोबर ते जानेवारी म्हयन्यांत चड फुलां येतात.

आबोलीचे मुखेल अशे चार प्रकार आसता.

१) केसरी आबोली : ताकां पिशीं आबोलीय म्हणटात. पिशा आबोल्यांच्यो पाकळ्यो पातळ आनी फुलिल्यो आसतात. तीं लेंव केसरी आसतात आनी रोखडीच बावतात. फुलांच्या फाटल्यान फळां आसतात. त्या फळांचेर उदक पडले म्हणटगीर तड तड करून आवाज जावन तीं भायर पडटात.

२) रतन आबोली : गडद केसरी रंगाची आसून तीं बेगीन बावनात. तेचपरी तांचो पाकळ्यो पुराय फुलिल्ल्यो नासतात. ह्या आबोल्यांक दिशा आबोल्यापरस चड मागणी आसता.

३) तांबडी आबोली : फुलांचो रंग तांबडो आसता. ताचे झाड (रोंप) सुत्रकृमी प्रतिकाराक आसता.

४) हळडुवी आबोली : फुलाचो रंग केसरी हळडुवो आसता अभिवृद्धी बियो आनी कांड्यापसून करतात. तमिळनाडू, कृषि विद्यापीठ, कोइंबतूर हांच्यानी आबोलीच्यो दोन जाती निर्माण केल्यात १) हळडुवी संकरीत – केसरी हळडुव्या रंगाचे फूल आसता ताचे झाड घटमूट आनी सुत्रकृमी प्रतिबंधक आसता.

२) गाड गुलाबी – हाची फुलां गाड गुलाबी आसतात.

आबोल्यांची फांती, वळेसर (झेलो) करून देवाक घालतात वा बायलां माळटात. शिगम्याच्या खेळांनी खेळपी दादले माथ्याक बांदिल्ल्या मुंडाशांक आबोल्याफुलांचें तुरे खोयतात. घोडमोडणी करपी कलाकार माथ्याक तशे गळ्यांत आबोलीच्या फुलांचे जेले घालतात. दसऱ्याच्या तरंगांक, तशें तीं खांदार घेतल्या मनशांच्या गळ्यांत आबोलीच्या फुलाचो माळो घालतात.

चडशें ह्याच फुलांचे वळेसर बाजारांत विकपाखातीर आसतात.

आबोलेचें झाड कोडू आनी उश्ण आसता. ताचें मूळ दुदांत शिजोवनय धव्या धुपणिचेर (Menorrhagia) वखद म्हूण पियेवंक दितात. हो वैजकी उपचार जाणकाराचे बुद्दीन करचो.

आबोलेच्या पानाक 'खार' हो रोग जाता. तेन्ना पानांचेर ल्हान ल्हान लेव पिंगशे दाग पडटात. हो रोग आळाबंदा हाडपाक बोर्दो (कॉपरसल्फेट आनी चुन्याची भरसण) मिश्रणासारख्या किटकनाशकांचो फवारो मारतात.

– सं. मं.

आमटाण : पळयात : चींच

आमरस : पळयात : आंब्या रसायन

आमान्य (आमस्राद्ध) : वर्स स्राद्धाचो एक प्रकार. मेल्ल्या मनशाच्या नांवान दर वर्सा, तो वा ती मेल्ली ते तिथीक घरचीं लोक स्राद्ध घालता. 'आम' म्हणजे 'शिजय नाशिल्लें आनी 'आमान्य' म्हणजे 'शिजय नाशिल्लें अन्न.' ह्या स्राद्धाक हेर प्रकारच्या स्राद्धासारखें शिजयल्लें अन्न वाडिना. शिजयल्ल्या अन्नाच्या जाग्यार शिजोवंक नाशिल्ल्या धान्याचो जेवो पुरोयत वा स्राद्धविधी करपी भटाक दिता. बाकिच्यो विधी हेर स्राद्धासारख्योच करता फकत स्राद्ध जेवण शिजयना.

स्कंदपुराणांत आमान्य खंयचे परिस्थितींत करचें हें सकयल्या श्लोकांत सांगलां.

द्रव्याभावे द्विजाभावे प्रवासे पुत्रजन्मानि
आमश्राद्ध प्रकुर्वोत यस्यभार्या रजस्वला॥

म्हणजे स्राद्ध तिथीक धन नासता, भट मेळना, स्राद्धकरपी प्रवासांत उरता, पुताचो जल्म जातां वा बायलेक भश्टेपण येता (मासीक पाळये वेळार) तेन्ना आमस्राद्ध करचें. म्हणजेच कांय कारणांक वा अडचणींक लागून तिथीप्रमाण स्राद्ध करप जमलेंना, तर आमान्य घालता.

– सं. मं.

आमोणकार, किशोरी : (जल्म : १० एप्रील, १९३१, मुंबय)

किशोरी आमोणकार, एक नामनेची हिंदुस्थानी शास्त्रीय संगीत गायिका म्हण प्रसिद्ध आसा. जयपूर घराण्याची नामनेची गायिका गानतपस्विनी मोगुबाय कुर्डीकार हिची ती धूव आनी शिश्या.

ल्हानपणासांवन किशोरीक गायनांची आनी सुरांची उपाट आवड आशिल्यान संगितांतले मुळावें धडे तिणें घरांतच घेतले. मुंबयच्या जयहिंद महाविद्यालयांत तिणें पदवीमेरेनचें शिक्षण पुराय केलें. किशोरी आमोणकार हिचें कोंकणीवांगडा इंग्लीश, हिंदी, मराठी, उर्दू ह्या भासांचेर प्रभूत्व आसा. उपाट वाचन आनी संगितसाधना करून तिणें आपलें गायन समृद्ध केलां.

ल्हानपणासावन सूक्ष्म निरिक्षण, अती तीव्र संवेदना, तल्लक बुद्धी, सुरांची समजिकाय, सैमीक, सुंदर आनी गोड असो आवाज ह्या सगळ्या गुणांची दैवी देणगी, किशोरीबायक प्राप्त जाल्ल्यान संगितांतले वेगवेगळे पांवडे आत्मसात करपाक तिका सहजतायेन संवय जाली. तिची आवय (माई) मोगूबायन

किशोरीक अत्रौली जयपूर घराण्याचे पारंपारीक पद्धतीन गाण्याचे शिक्षण दिलें.

आग्रा घराण्यांतले कलाकार अन्वर हुसेन खाँ आनी संगीत साधना केल्ल्या अंजनीबाय मालपेकार हांचेकडेन किशोरीन संगिताची तालीम घेतली. तशेंच खाँ सायब अन्वर हुसेन खाँ, अमान अली खाँ, अमीर खाँ हांचेकडेन गायकिचे अभ्यासपुर्वक श्रवण केलें. तशेंच पं. गोपाळराव, मोहन पालेकार, पं. हुस्नलाल हांचेकडल्यान तिणें शास्त्रीय संगिताचे शिकप घेतलें.

किशोरीबायची ख्याल मांडपाची तरा, अंतरो, अस्ताई, बोलतानो, द्रूत लयितली चीज म्हणपाची खाशेली पद्धत अशे कितलेशेच सोबीत आविश्कार तिच्या गायनांतल्यान दिसता.

किशोरीबायन सुमार पाउणशीं चिजो आनी तराणे स्वतः बांदल्या आनी कांय नवीन राग स्वतंत्रपणान तयार केल्यात. तशेंच तिणें आपल्या गायनाच्या मळार बरींच परिवर्तनां हाडल्यात, पूण तरी ती म्हणटा, 'म्हज्या गाण्यांचे श्रेय आयजय जयपूर घराण्याकच वता.

सुरवातीक, इंदोर आकाशवाणीन तिच्या गायनाचो जलसो घडोवन हाडल्या उपरांत अमृतसराच्या कांय संगीत मोग्यांनी तिची जाहीर कार्यावळ केली. तेन्नासावन आयजमेरेन सुमरा ३५ वर्सां तिणें देशांतल्या कितल्याश्याच शारांनी आपणाल्या गायनाच्यो कार्यावळी सादर केल्यात.

आकाशवाणी आनी दूरदर्शनचे राष्ट्रीय कार्यावळी तशेंच संगीत संमेलनां हांचेवरवीं तिणें श्रेष्ठ गायिका म्हण नामना जोडल्या. आपणाल्या गायन तपश्चर्येवांगडाच, संगीत शास्त्रांवेल्या ग्रंथांचें वाचन, शब्द, काव्य, रस, भाव, सूर, ताल, लय, गुरुशिश्य परंपरा, घराणी, चीज, बंदीश, नृत्य नाटक ह्या विशयांचें गिन्यान गावप्याक आसूंक जाय अशें तिचें स्पश्ट मत आसा.

आपणालें आवयविशींचे गुरुभक्तीचो तिका आदर आसा. 'स्वर होच ईश्वर' हो तिचो भावार्थ. शास्त्रीय गायनावांगडाच, ठुमरी, भजन, भावगीत हे प्रकार गावपांतूय ती फिशाल आसा. 'गीत गाया पत्थरोंने' हें तिचे फिल्मी गितूय बरेंच गाजलें. पूण फिल्मांतल्यान गावप हें आपलें ध्येय न्हय हें जाणून तिणें तो मार्ग सोडलो. संत ज्ञानेश्वराच्या जिविताचेर 'तोचि नादु सुस्वरू आला' आनी मीरेच्या भजनांवेली 'म्हारो प्रणाम' ही कार्यावळ तिचे ईश्वरभक्तीची गवाय दिता.

पिरायेच्या २० - २२ वर्सांसावन किशोरीबाय स्वतंत्रपणान मैफिली गाजोवपाक लागल्यो. नाविन्य आनी प्रयोग शिलतेची ओडय तिच्या गायनांत दिसपाक लागली.

भारतांत तिच्यो खूब कडेन मैफिली जाल्यात. आकाशवाणीवेल्या संगिताच्या अखिल भारतीय

कार्यक्रमांत आनी आकाशवाणी संगीत संमेलनांत दर्जेदार आनी भाव बुद्धिप्रधान गायनान तिणें श्रोत्यांक संगितानंद दिला.

संगीत शिकपी नवे पिळगेक आश्रम नाजाल्यार गुरुकूल पद्धतीन शिकयल्या बगर भारतीय संगिताक उंचेलो फुडार ना अशें तिचें स्पश्ट मत आसा. आनी तिणें तें आपल्या शिश्यांखातीर प्रत्यक्षांत हाडलां. शशिकला शिरगोपीकर, अश्विनी भिडे, मधुरिका जोशी, नंदिनी पण्णीकार, रघुनंदन पणशीकर ह्या तिच्या शिश्यांनी संगीत मळार नामनां जोडल्या.

तरणें पिळगेमदीं शास्त्रीय संगिताची आवड निर्माण करपाक तिका यश आयला. स्वरांतली सिद्धी, अणभव, चिंतन आनी अभ्यास हाका लागून तिचें गायन संपन्न जालां. गायन विद्येभायर ती एक बऱ्यापैकी कवयित्री, तशेंच चित्रकाम आनी रांगोळेचे कलेंतूय ती प्रवीण आसा. मानभोवमान, लोकप्रियता आनी उपाट यश मेळयिल्ली ही प्रज्ञावंत गोंयकार गायिका आयज आंतरराश्ट्रीय नामनेची एक म्हान संगीत जाणकार म्हण तोखणायेक पात्र थारल्या.

भारतांत तशेंच भारताभायर परदेशांत संगिताच्यो कार्यावळी करून किशोरीबायन खूब कीर्त जोडिल्ली आसा. १९५८ वर्सा 'फेस्टिव्हल ऑफ इंडिया' या कार्यावळी अंतर्गत अमेरिकन लिंकन थिएटरांत तिची कार्यावळ जाली. पॅरिसांत विंटर फेस्टिव्हलांत गावपाचो भोवमान तिका प्राप्त जालो. १९८६ या वर्सा संगीत नाटक अकादमीन तिचो सत्कार केलो. १९८७ या वर्सा भारतांतल्या राष्ट्रपती कडल्यान 'पद्मभूषण' हो किताब तिका प्राप्त जालो. त्याच वर्सा 'यंग इंडियन' हो पुरस्कार तिका मेळलो. गोमंतक मराठा समाज मुंबय हांगा किशोरीबायक मानपत्र दिवन तिचो सत्कार केलो. गोमंतक विद्या निकेतन (मडगांव) ह्या संस्थेन तिका आजीव वांगडिपणाचो भौवमान दिला. १९८७ वर्सा 'वनिता समाज' मुंबय तशेंच 'वसंतराव नायक' पुरस्काराचो मान तिका फावो जाला. संगीत नाटक अकादमीन २००९ वर्साचो अकादमी रत्न हो प्रतिश्टेचो पुरस्कार दिवंन तिचो भोवमान केला.

तिणें संगितांतल्या राग-रस-सिद्धांताचेर ''स्वरार्थ रमणी : राग-रस सिद्धांत'', हो संगितांतल्या विविध घटकांचे विविध पैलू दाखोवपी, आप अणभवांचेर आधारीत ग्रंथ बरयला.

– सं. मं.

आमोणकार, सुरेश गुंडु : (जल्म : २२ मार्च १९३५, बोरये, फोंडें – गोंय)

गोंयचे लेखक, शिक्षणतज्ञ, तशेंच शिक्षणीक प्रशासक. ताचें शालेय शिक्षण म्हापशां सारस्वत विद्यालय आनी अँग्लो – पुर्तगीज इन्स्टिट्युटांत जालें. १९५४ त बॉम्बे विद्यापिठाची पदवी आनी १९७५ त त्याच विद्यापिठाची पदव्युत्तर पदवी घेतली.

१९५४ – ५५ वर्सा म्हापशेच्या अँग्लो – पुर्तुगीज इन्स्टिट्युटांत आनी १९५६ – ६० वर्सा केनया-मोंबासा हांगा आशिल्ल्या गोवन हायस्कुलांत शिक्षक म्हणून काम केलें. १९६० – ८० वर्सा म्हापशेच्या न्यू गोवा हायस्कुलाचो मुख्याध्यापक जालो. १९८९ – १९९१ वर्सा राज्य प्रौढशिक्षण अभियानाचो तो संचालक आसलो. १९८०–८८ वर्सा तो गोंय सरकाराच्या माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक बॉर्डाचो अध्यक्ष जालो. भारत स्काऊट आनी गाईडस् संस्थेचो गोंय फांट्याचो तो चीफ कमिश्नर आसलो. हीं कामां सांबाळ्ळुनूय ताणें शिक्षणीक आनी सामाजीक

मळार वावर केलो. १९६४-६५ वर्सा म्हापशेंच्या रॉटरी क्लबचो तो चार्टर अध्यक्ष आसलो. १९७०-७६ आनी १९७६-१९८० ह्या दोन कार्याकाळांत तो म्हापशेंच्या नगरपालिकेचो नगरसेवक आसलो. उपरांत १९७५-७६ काळांत तो हें पालिकेचो अध्यक्ष जालो. १९७६ वर्सा ऑल इंडिया कोंकणी रायटर्स कॉनफरन्सचो अध्यक्ष आनी महाराष्ट्र स्टॅट ॲन्ड गोवा आर्ट टिचर्स कॉनफरन्सचो अध्यक्ष आसलो.



साहित्यीक मळारूय ताणें मोलादीक वावर केला. हॅण्डबूक फॉर हॅडमास्टर्स ॲण्ड टिचर्स, रिपोर्ट ऑन वोकेशनलायजेशन ऑफ एज्युकेशन इन आंध्रप्रदेश आनी रिपोर्ट ऑन वोकेशनलायजेशन ऑफ एज्युकेशन इन कर्नाटका 'हॅंडबूक फॉर हेडमास्टर्स ॲंड टिचर्स' हीं ताची शिक्षणीक मळावयली साहित्य निर्मिती. ताणें 'धम्मपद', 'श्रीमत भगवद्‌गिता', 'कुरल', 'ज्ञानेश्वरी', 'जातक कथा', 'जेन कथा', 'जापुजी सहीब', 'गोस्पेल अकोर्डींग टू जॉन', ह्या क्लासीक ग्रंथांचो कोंकणींत भाशेंत अणकार केला.

ताच्या शिक्षणीक आनी साहित्यीक मोलादीक योगदानाखातीर ताचो जायत्या संस्थांकडल्यान भोवमान जाला. ताका १९७६ वर्सा 'गोवा स्टेट टिचर' चो पुरस्कार फाव जालो. गोंय मुख्याध्यापक मंडळांत ताणें केल्ल्या वावराक लागून १९८० वर्सा ताचो भोवमान केलो. एक बरो शिक्षक म्हूण ताणें काम केल्ल्यान १९९६ वर्सा ताका म्हापशां गणेशोत्सव सिटिझन पुरस्कार फाव जालो. 'धम्मपद' ह्या पाली भाशेंतल्या ग्रंथाचो कोंकणींत केल्ल्या अणकाराखातीर ताका केंद्रीय साहित्य (अनुवाद) पुरस्कार फाव जालो (१९९९), 'भगवद्‌गीता' कोंकणींत अणकार करून हाडिल्ल्यान म्हापशेंच्या रोटरी क्लबाचो भोवमान (२००२), १६ वें अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलनाचेवतीन ताणें केल्ल्या साहित्य वावराक लागूनं पुरस्कार (२००३), ताणें केल्लो अणकारीत वावराखातीर सावर्डे कोंकणी कला केंद्राचेवतीन सर्गेस्त. श्याम काकोडकर पुरस्कार (२००४). साहित्य, कला आनी संस्कृती मळार विशेश करून ताणें 'ज्ञानेश्वरी' ग्रंथाचो अणकार केल्लेखातीर ताका ज्ञानेश्वर महाराज गुरूकूल संस्थान आळंदी (पुणें) चो पुरस्कार (२००५). गुरूकुल प्रतिष्ठान - पुणें पुरस्कार (२००५). गोंय सरकाराचो राज्य पुरस्कार १९७९ वर्सा फाव जालो. शिक्षणीक मळार वावुरताना ताणें इंग्लंड (१९८४), अमेरिका (१९८४), कॅनडा (१९७३) हांगच्या शिक्षणीक संस्थांक भेट दिवून, थंयच्या शिक्षणीक उपक्रमांची वळख करून घेतली. मोंबासा (केनया) हांगा १९५६-६० वर्सा थंयच्या विद्यार्थ्यांक शिकोवपाचें काम केलें. तेभायर कोलंबो (श्रीलंका) वचून, पाली भास आनी बुद्ध धर्मासंबंधी जाणकारी करून घेतली.

- सं. मं.

आयणो : मानवी हालचालीन वारें घेवपाची वस्त. उबाळादिसांनी गरमेपासून संरक्षण घेवपाच्या उद्देशान, आंगार वारें शिंवरपाखातीर कसलीय हलकी वस्त वावुडपाची पद्दत आसा. कांयजाण कपड्या कुडको तर कांय जाण दाट पान वा साल ना तर पेपराची घडी ह्याखातीर वापरतात. आदल्या काळांत वारें घेवपाक आयणो हें खाशेले वस्तिचो वापर करताले. कोंड्याच्या वेळां पासून तयार केल्लो २०x२० सें. मी. लांबी रुंदयेचो चवकोनी हातरेसारको कुडको एकवटेन कोंड्याचे कांबीक विणून आनी तो वावुडपाक मुठभर कांबी कुडको मेकळो दवरून पारंपारीक आयणो तयार जातालो. उप्रांत ह्या मुळाव्या आयण्यांत आकाराचे नदरेन तशो रंगाच्यो मोदी आयल्यो. एका हातान आयण्याची मूठ धरून आयणो वयर सकयल वावुडलो की ताच्या घर्शणांतल्यान हवेंतलें वारें मनशाच्या आंगार शिंवरून ताका गरमेच्या दिसांनी थंडसाणिची थकाय मेळटाली. आपले आपणेच आपणाक वा दुसऱ्या कोणायकडल्यान आ[illegible]ण्यावरवीं वारें घेवप जातालें. कोंड्या – वेळांवांगडाच, पानां, तण, पाखां, कापड अशा हलक्या वस्तीपासूनय आयणे करतात. धांपपी – उक्ते जावपी (folded) आयणेय आसात. आदल्या काळांत राज महालांनी लांब दाण्याच्या कापडी अब्दागिरी आयण्यांचो वापर जातालो. तशेंच कुडभर पातळिल्ल्या कापडी झालरिंचे झालरी – आयणे, महालानी आनी मंदिरांनी आसले. सगळ्यो झालरी एके दोरयेक बांदिल्ल्यो आसल्यान ती दोरी एकल्यान ओडली सोडली की झालरींच्या हालचालींत कुडिंतले वारें कुडभर



शिंवरतालें. लग्नाच्या सव्यार न्हवऱ्याक वारें घालपाक धेडयाच्या हातांत आनी व्हेकलेक वारें घालूंक धेडयेच्या हातांत आयणो दिवपाची पद्दत आजय आसा. देव–देवतांचे पालखेचे मिरवणुकिवेळार, देवाचे म्हाजन रेशमी धाग्यांपासून तयार केल्ल्या एका खाशेल्या रुप्यामुठिच्या आयण्यांवरवीं पालखेंतले देव–देवतेक वारें घालता. ताका 'चंवरी' म्हणटात.



आधुनीक काळांत पंखे, एसी सारकीं वारें घेवपाचीं यांत्रीक उपकरणां आयिल्ल्यान, आदल्या काळांतले आयणे सोबे पुरते आनी सांस्कृतीक संदर्भापुरते उरल्या.

– सं. मं.

आयतार पुजा : (चुडी पुजा, शिरवण आयतार)

आयतार म्हळ्यार 'आदित्यवार.' 'आयताराची' पुजा म्हळ्यार आदित्याची – सूर्याची पुजा. सूर्य – सृष्टीचो पालनकर्तो. ताचेच उर्बेचेर उश्णतायेचेर संवसार चलता. श्रावण म्हयन्यांत जितले आयतार येतात, तितल्याय आयतारांक सवायशिणी बायलो व्रत करतात. नवें व्हंकलेक तर ह्या व्रताचो चड बोवाळ. सर्वसाधारणपणान आयतार 'चार' येतात. नवें व्हंकलेन हातुंतले 'दोन' आयतार आवयगेर, जाल्यार 'दोन' आयतार घोवागेर पुजेक लावपाचे आसतात. पांच आयतार येत जाल्यार तिणें एक दुसऱ्या कोणागेरय वचून पुजेक लावचो पडटा. हे 'आयतार' पुजून सुर्याविशिंची कृतज्ञताय मनीस उक्तायता. श्रावणांतले 'आयतार' पुजूंक खेरीत कारण आसा. आदल्या तेंपार लग्न जावन नव्यानूच घोवागेर गेल्ले व्हंकलेक आपल्या कुळारा परतुपाचें एक 'नीब' जाय आशिल्लें. तातुंतल्यानूच पयलो 'आयतार' कुळारा येवनच पुजपाचें शास्त्र निर्माण जालें. ह्या आयताराचें व्रत बायलो आपल्या घोवाक दिर्घायुश्य मेळचें म्हण करतात. दनपारचें एक जेवण जेवन हें व्रत करतात. श्रावणांतलो पयलो आयतार नवे व्हंकलेन घोवाघरा पुजल्यार तिच्या घोवाक मांवाक, तें वायट पडूं येता अशी आख्यायिका आसा.

सवाशीण बायलो सकाळींफुडें उठून न्हांवनधुवन 'पत्री' (वनस्पत- पानां) हाडटात. हातुंतली कांय पत्री भोंवतणीच जावपी फुलझाडांचीं वा हेर उपेगी झाडांची आसता. जाल्यार कांय पत्री लागीं – लागसारूच जावपी ल्हान–ल्हान वनस्पतिंची आसता. पुर्वजांली ह्या पत्रींक दिसपाक मजेशीर पूण अर्थपुराय अशीं नांवां दवरल्यात. देखीक कावळ्याचे फोव, घोड्याचीं पावलां, सोश्यांचे कान आदी. एक तांबयो (कलश) घेवन भितर उदक घालतात. हळद – पिंजर लायिल्लो एक नाल्ल ताचेर दवरतात आनी मागीर हो कलश पाटार वा खोल्यार पुजूंक दवरतात. पाटाचे उजवे वटेन दिवली पेटोवन दवरतात. ह्या पाटा भोंवतणी वा पाटामुखार सोबीत रांगोळी घालतात. 'दाव' म्हण एक धवो कपडो घेतात. तातूंत सुपारी, हळडिचो कुडको (कूट), गंध, हळद–पिंजर लायिल्लें फूल आनी नाणें बांदून एक दोण्यांत दवरतात. दोण्यांत आशिल्ले सुपारेक 'वरूणदेव' जाल्यार नाण्याक 'लक्ष्मी' मानतात. श्रावणांतल्या सगळ्या आयतारांक होच 'दाव' सांबाळून दवरून पुजतात. तेचभशेन कलश आनी नाल्ल लेगीत तोच उरता.

दाव दवरपाक जे दोणे (द्रोण) करतात, ते मात दरेका आयताराक बदलतात. पयल्या आयताराक पारजताचीं पानां, दुसऱ्याक हळडिचीं, तिसऱ्याक खांवचीं पानां, जाल्यार, चवथ्या (आनी पाचवो आयलो जाल्यार) शेरवडिचीं पानां 'द्रोण' करपाक वापरतात. एकवीस हरयाळिचीं केसरां नाल्लाचेर दवरतात. पांच केसरां दरेकी दोण्याचेर, विड्याचेर (खावचें पान आनी सुपारी), आनी सूर्याक ओंपतात. तशेंच पांच हरयाळेचीं केसरां पूजा करपी बायल आपल्या माथ्यार माळटा. 'आयतार' पुजतनाच दिवलेचीय पुजा जाता.

निमण्या आयताराक (चौथो वा पाचवो) शेरवडिचीं पानां दोणो करूंक वापरतात. हीं पानां धव्या रंगाचीं आसतात. हीं पानां पिकिल्ल्या केंसाभशेन आशिल्ल्यान, तशेंच हो आयतार निमाणो आशिल्ल्यान ताका 'म्हातारो' आयतार म्हणटात. पांचव्या आयताराक (आयलोच जाल्यार) स्त्रीलिंगी

झाडाच्या (देखीक हळद, शेरवड आदीं) पानांचोच दोणो करतात.

कसल्याय फळांचो आनी पंचामृताचो निवेद दाखयतात आनी पुजा जातकच तो प्रसाद आनी तीर्थ म्हण भक्तिभावान वांट्टात. तेभायर दरेका आयताराक वेगळो-वेगळो खाशेलो निवेद दाखयतात. ह्या चारय आयताराक वेग-वेगळें गोडशें करपाचें आसता. पयल्या आयताराक 'मुठले' (खोबरे आनी गोडाचें चुन्न भरून तांदळाच्या पिठाचे मुठळ्या आकाराचे उकडिल्ले पदार्थ) मुठल्यांचो निवेद दाखयतकीच 'आयतार' स्थीर एका जाग्यार बसता. दुसऱ्या आयताराक पातोळ्यो : पातोळ्यांचो निवेद दाखयतकीच आयतार 'पातळावन' बसता. तिसऱ्या आयताराक आंटवाल : पातळिल्लो आयतार एकठांयता असो अर्थ लायता. चौथ्या आयताराक 'पोळे' : पोळ्यांचो निवेद दाखयतकीच आयतार पळटा असो समज आसा. आनी एखाद्र्या वेळार पांचवो आयतार आयल्यार ताका 'धंय शिताचो' निवेदय दाखयतात. हो आयतार म्हणजे 'गवळी' असो समज आसा.

कांय कडेन आयतार पुजपाची चाल वेगळे रितीन करतात. सकाळीं फुडेंच न्हांवन - धुवन अनवाळे जावन आयतार पुजेक लायतात. चुट्टेचें एक 'वक्ल' करून पाटार एके केळी शिर्तेर दवरतात, कांय जाणांगेर ह्या वक्लाच्या बदला पणसाच्या खोलयांचे दोन 'दोणे' करून पाटार उमथे दवरतात. हाका 'व्हंकल - न्हवरो' अशें म्हणटात. सूर्य-चंद्राची ती सांकेतीक प्रतिमा अशेंय मानतात.

वक्लाच्या एका दोळ्यांत 'हळदीकुंद' दवरतात. जाल्यार दुसऱ्या दोळ्यांत 'विडो' दवरतात. तेत्तीस दुर्वांची एक चुडी आनी बत्तीस दुर्वांची एक चुडी अशो दोन चुड्यो करून दोनींय दोळ्यांनी एकेक

दवरून त्यो पुजेक लायतात. तेत्तिसांचे चुडयेंत 'कावळ्याचो फोव' बांदतात. ह्यो चुडयो 'तेऱ्याच्या वायान' बांदपाच्यो आसतात. बत्तीसांची चुडी सुपारेकडेन जाल्यार तेत्तिसांची हळदिकुंटांकडेन दवरतात. अशेतरेन पुजा केल्या उपरांत निवेद दाखोवपाचें स्वरूप वयर सांगिल्ले प्रमाणूच आसता.

केन्ना केन्ना बायलो आयताराक फकाणांनी 'घोव पुजेक लायला' अशें म्हणटात.

सकाळीं पुजेक लायिल्लो आयतार सांजवेळा उत्तरपुजा करून घांट वाजयत तुळशींत पावयतात. निमण्या आयताराक तुळशींत पावयतकच (विसर्जन करतकच) दाव सोडून तातुंतली सुपारी 'प्रसाद' म्हण बायलां खातात. नाल्लाची पंचखाद करून घरच्यांक आनी शेजाऱ्यांक वाडटात. आनी अशेरितीन 'आयताराची पुजा' सोंपता.

– सं. मं.

आयानम (अविधवा नम) : घोव आसताना मरण आयिल्ले बायलेच्या मरणाक आयावपणाचें मरण म्हणटात. अशें मरण योवप हें तिच्या भाग्याचें लक्षण समजप जाता. आपणाक आयावपणाचें मरण येवचें अशी कांय बायलांची इत्साय आसता. आयावपणाचें मरण पुण्यवान बायलांकच येता आनी ह्यो बायलो सर्गांत पावता अशी समजूत समाजांत घोळटा. घोव मेल्ले बायलेक 'रांडाव' म्हणपाची चाल आसा आनी तिका धार्मीक चालीरितीनीं वांटो घेवक मनाय आसता. ही अशी पक्षपातीपणाची तशी अन्यायाची वागणूक समाजाकडसून मेळटा आशिल्ल्यान, आयावपणाच्या मरणाची इत्सा मुखार सरता आसूं येता. ही एक तरेची अन्यायाची वागणूक आसा, आमी ते संबंधीं समाजान आपलो विचार सुदारपाची गरज आसा.

मरण आयिल्ल्या मनशाचें घरचीं वर्सस्राद्ध घालता. हें स्राद्ध मरणाचे तिथीदिसा घालप आसता. आयावपणाचे मरण आयिल्लें सवायशीण बायलेचें स्राद्ध मरणाचे तिथीक न घालता, आयानमी दिसा घालता. ही आयानम भाद्रपद म्हयन्याचे वद्य नमी दिसा येता आनी हे नमी दिसा आयाव बायलेचें स्राद्ध करता.

आयानमीच्या स्राद्धाच्यो विधी हेर स्राद्धासारख्योच आसता. ह्या स्राद्धाक सवायशीण बायलेक रावयता आनी तिका जेवण, तशें खण आनी साडी वा हेर न्हेसण मेल्ले बायलेच्या नांवान भेट म्हणून दिता. अशें करून रावयल्ले बायलेवरवीं मेल्ले सवायशीण बायलेक जेवण आनी न्हेसण पावता अशी स्रद्धा घरचे लोक बाळगिता.

– सं. मं.

आरत – १ : तेल वा तुपान भिजोवन पेटयल्ल्यो कापसाच्यो वाती देव वा मनशामुखार ओंवळटा ताका आरत दाखोवप म्हणटा. देवाचे पुजेंत आरत करप हो एक पुजनविधी. पडग्यांत वाती वा निरांजना पटोवन त्यो देवाभोंवतणी ओवाळप हाका देवाची आरत करप म्हणटात. आरत करतना दाव्या हातान घांट वाजोवप आनी उजव्या हातान आरत देवा भोंवतणी (दावेकडच्यान उजवेवेटन) ओवाळटा. आरती तरेतरेच्यो आसतात. पयली धुपारत (धुपाचो वापर केल्लो), मागीर उजवात दाखोवप, मागीर एकारत

(एकच वातिची), पंचारत (पांच वातिंची) आनी इकरा वाती आशिल्ली आरत. कांय देवळांनी मालें आसता. मालें म्हणजे सकयल तेरा वाती, ताचे वयर ११, ९, ७ आनी ५ वातिंची आरत आसता. हाका 'आरतींचें झाड' वा 'रथा - आरतीय' म्हणटात. तेभायर पडग्यांत खूब वाती घालून त्यो पेटोवन देवाक दाखोवप हाका 'जोडवीं जळप' म्हणटात. निमाणी कापरां - आरत (कापूर पेटयिल्ली) दाखयतात. आरत जातकीर निवेद्य वाट्टात. आरती करपाचे खरें कारण म्हणल्यार देवाक प्रसन्न करप. अशेंय एक



कारण सांगतात की पयलिच्या काळांत विजेचे दिवे नाशिल्लयान देवाची मूर्त दिसच नाशिल्ली. ती बरी सारखी दिसची म्हूण आरती करताले. हाकालागून तरेतरेच्यो आरती करपाचो प्रकार चालू जालो. पयलिच्या काळांत राजालोक, सेनापती युद्ध करून जिंकून येताले तेन्ना तांकां आरती ओवाळून तांचे स्वागत करताले. विद्वान, पंडितांकूय आरत्यो दाखयताले. लग्रा वेळार लग्नलागचे पयलीं लग्नाच्या माटवाच्या दारार व्हकलेकडच्यो सवायशिणी न्हवऱ्याक ओवाळून भितर घेतात. दिवाळेक बायल, घोवाक आनी भुरग्यांक आरतीन ओवाळटा. रक्षाबंधन आनी भाऊबिजेक भयण, भावाक ओवाळटा. कोंकणांत तुळशी लग्नादिसा कुळारच्यान जोडवीं धाडपाची प्रथा आसा. ती जोडवीं तुळशी लग्नादिसा तुळशी भोंवतणी ओवाळटात. सवायशीण बायल मेली जाल्यार तिच्या नांवान दुसरी बायल जोडवी तुळशीक पेटयतात. तशेंच पिंपळ, वड, शमी वा आपट्याच्या झाडांकूय त्या त्या वेळार आरत ओवाळटात. भुरग्यांच्या बारशाक, वाढदिसाक आरत दाखयतात. लिंगयत लोकांक दादल्याचे प्रेत घरांत आसा म्हणसर ताची बायल ताका आरत ओवाळटा. आरत दाखयतना, वात पालोवची न्ही, तशेंच हातांतली आरत सकयल पडची न्हय असो संकेत आसा. तशें जावप अशूभ आनी संकश्टदायी मानतात. अशें घडलें तर दिपपतन शांती करतात.

– सं. मं.

आरत – २ : देवाक आरत दाखयताना, देवाची तुस्त करपी तशें देवाकडेन मागणी करपी गितां म्हणटात त्या गितप्रकाराक आरत म्हणटात. ती गीत प्रकार जाल्ल्यान ताका ताळ, पखवाज, पेटी, घुमट, शामेळ, कासाळें ह्या वाद्यांची साथ दिता. प्रत्येक देवाची वेगळी अशी आरत आसता. गणपती, महादेव, दुर्गा, विठोबा, कृष्ण, सत्यनारायण अशा देवांच्यो स्वतंत्र आरती आसून तातूंत त्या त्या देवाक होरावणी करतात. 'सुखकर्ता दुखहर्ता वार्ता विघ्नाची' ही गणपतीची मराठी आरत खुपूच लोकप्रिय आसा. 'जयदेवा जयदेवा जय गणपती राया, शरण तुज्या पायां, आसूं आमचेर माया' ही कोंकणी आनी 'सिंदूर लाल चढाओ अच्छे गजमुखको' ही हिंदी गणपतिची आरत आसा. कोंकणांत चवथिच्यो (गणपती

पुजेच्यो), नवरात्रिंतल्या देवांच्या मखराफुडल्यो, तुळशी लग्नाच्यो आरती ह्यो खाशेल्यो आरती आसता. चवथिच्यो घुमटां – आरती (घुमटां, शामेळ आनी कासाळें) हो खाशेलो आरती प्रकार आसता. हालिंसरां, आरती गायन वादनाच्यो राज्य पांवड्यार



सर्ती आयोजीत जाता. हातूंत जायते पंगड वांटो घेवन आपली कला सादर करतात अशा सर्तिनीं फकत गायन – वादनच जाता. आरती पेटोवप जायना. तशेंच त्यो देवामुखार जाय नासताना, प्रेक्षकांमुखार जाता आशिल्ल्यान तांकां धार्मीक पुजनाचो संदर्भ लागना. एक पूजन विधी म्हणून न्हय तर एक कला – सादरीकरण असो तो प्रकार आसता.

– श्री. माणिकराव राम नायक गावणेकार

स. मं.

आरावणो (सेस्सारो) : लग्नकार्यातलें धार्मीक संदर्भ आशिल्लें, एक आयदण. हें आयदण कोंड्या – वेळाचें करतात आनी लग्नापयलीं तें हेर म्हारवता – वांगडा (कोंड्याची दाळी, वल्ली, आयणो, कुकमा – डबी आदी) घरांत हाडटात. हेर म्हारवताच्या मानान, आरावणो हें आयदन सगळ्यांत व्हडलें आसता. तातूंत वीसेक नाल्ल आनी सुमार दोन – तीन कील सुरय तांदूळ दवरपाइतकी सुवात आसता. हें म्हारवत कोंकणांतल्या दर एका लग्नाक वेगवेगळ्या उपेगाखातीर लागता आनी तें विणून तयार करपी कोंकणांतली म्हार ही खाशेली जात आसता.

लग्न कार्यांत मुखेलपणान लागपी नाल्ल आनी तांदूळ लग्नसुवातेर व्हरपाचें आयदन म्हणून ताचो वापर जाता आसलो, तरी ताका हेर वस्तीप्रमाण धार्मीक संदर्भय प्राप्त जाला. व्हंकलेकडचो एक आनी न्हवऱ्याकडचो एक अशे दोन आरावणे लग्न सुवातेर (सव्यार) दोनय वटेनच्यान हाडप जाता. आरवण्यांतल्या नाल्ला – तांदळाचो वापर थंयच्या देवकृत्याखातीर करप जाता. विशेश म्हणजे हे आरावणे न्हंवऱ्याच्या आनी व्हंकलेच्या मामान घेवन थंय येवचें आसता. लग्न लागताना न्हंवऱ्या – व्हंकलेच्या माथ्यार, न्हवऱ्या – व्हंकलेचो मामा मुठिंनी तांदूळ सोडटा ते ह्या आरवण्यांतले आसता. लग्नाची माळ पडटकीर ह्या आरवण्यांची अदला बदल करतात. न्हवऱ्याकडलो व्हंकलेकडेन आनी व्हंकलेकडलो न्हवऱ्याकडेन अशी ती एकाच वेळार अदला बदल जाता. ती करतना व्हकलेकाडिलो आरावणो सकयल आनी न्हवऱ्याकडलो ताचे वयर दवरपाची प्रथा आसा. व्हंकले परस न्हवऱ्याची सुवात वयली आसा असो ते अदला – बदलेच्या मांडा वळिंतलो संकेत आसा.

– सं. मं.

आल्बुकेर्क आफोंस द : (जल्म १४६० पुर्तुगाल; मरण : १६ डिसेंबर १५१५)

भारत धरून पुर्वेकडच्या प्रदेशांनी पुर्तुगीज वसाहती निर्माण करपाचो मोहिमेंतलो एक मुखेल मुत्सद्दी. ताणें भारतांतल्या पुर्तुगीज वसाहतींचो गव्हर्नर म्हणून काम पळयलें.

ते आदीं ताणें पुर्तुगिजांवतीन स्पेन आनी आफ्रीकेंत जाल्ल्या झुजांत वांटो घेतिल्लो. ताका पुर्तुगालान १५-०३-०४ त भारताचे मोहिमेर धाडिल्लो. १५०७ त ताणें ताचेवांगडा धाडिल्ल्या त्रिस्तांव द कुन्य हाच्या सांगातान अरबी समुद्रांतल्या सोकोत्रा बेटाचे ताबो घेतलो. उप्रांत होमुर्झ ह्या वाठाराचेर शेक चलोवन तो भारताचे दिकेन वचपाक भायर सरलो. डिसेंबर १५०८ त तो भारताचे पश्चीम दर्या देगेवयल्या कन्नूर वाठारांत पावलो. ताणें १५१० त आदील शहाकडल्यान गोंय घेतलें आनी पुर्तुगीज दर्यापार साम्राज्याखातीर गोंय हें ताणें वेपाराचें मुखेल ठाणें तशें भारतांतलो शाश्वत असो नावीक तळ म्हणून वापरलें. १५११ त ताणें मलाक्का काबीज करून थंयच्यान ईस्ट इंडीज आनी चिनातल्या वेपाराचे नियंत्रण दवरलें. आल्बुकेर्काच्या गव्हर्नर पदाचे कारकिर्दींत पुर्तुगीज आरमाराचो चिनाचे दर्यादेगेक आनी इस्ट इंडियाच्या कांय जुंव्यामेरेन संचार जावंन पुर्तुगीज नावीक दलाचे शेक पुर्वेक खूप भितर मेरेन पावलो.

१५१२ त ताणे पर्थून गोंयांत येवंन गोंयच्या पुर्तुगीज कारभारांत सुदारणा केली. राजकारभाराचो एक भाग म्हणून थळाव्या बायलांकडेन लग्न करतल्या पुर्तुगीज सरदारांक ताणें जमनी तशें हेर सुविधा दिल्यो. १५१३ त ताची एडनावयली घरी फसिल्ल्यान तो तांबड्या समुद्रांतल्यान (रेड सी) मुस्लीम जहाजांचो वापर आडावंक शकलोना. थंयसावन पर्थून भारतात

येतकार ताणें कँबेच्या राजाकडल्यान दीव हांगा किल्लो बांदपाचो अधिकार घेतलो. ताच्या एकंदर कार्याक लागून आनी ताच्या वैयक्तीक संबंधाक लागून, पर्सियाचो शाह, कॅलीकटचो झामोरीन आनी सियाम आनी मलाक्काच्या राजांकडल्यान ताचेकडेन इश्टागतीचे संबंध जुळून आयलें. आल्बुकेर्काच्या कारकिर्दींत ताणें केल्ल्या वावराक लागून तशेंच ताणें आपणायल्या राजकीय, प्रशासकीय आनी हेर तरेच्या हिकमतींतल्यान, सतराव्या शेंकड्यामेरेन, पुर्वेक वेपारी – मळार पुर्तुगिजांकडेन सागरी वेपाराची

सुत्रां उरलीं.

अशा ह्या शूर आनी हिकमती दर्यावर्दी सरदाराचो अंत सुखद जालोना. ताचें कारकिर्दींत ताचेकडेन दुस्मानकाय जाल्ल्यांनी, पुर्तुगालांत ताचे आड कारस्थान करून, ताका सत्ताभ्रश्ट केलो. ज्या पुर्तुगालाचें नांव आनी दरारो करपाक तो वावुरलो. त्या पुर्तुगालच्या ते वेळच्या शासकांकडेन ताचें पटलेंना आनी ताच्या वांट्याक विजनवास आयलो. हेच परिस्थितींत ताका दर्यारच मरण आयलें.

आफोंस द आल्बुकेर्क हाचो पुतळो पणजे (गोंय) आझाद मैदानावयले घुमटेंत पुर्तुगीज सरकारान उबारिल्लो, तो गोंय स्वतंत्र जातकीर, रोखडोच लोकांनी उत्स्फूर्तपणान हुमटून काडलो. उप्रांत तो ओल्ड गोवा हांगच्या वस्तुसंग्राहलयांत व्हरून दवरलो.

– सं. मं.

आल्बुकेर्क जोसेफ : (जल्म : १८९६, मरण : १९५०)

गोंयचो किरिस्तांव धर्मफुडारी. डापाड्डा वाठारांतलो तो मुळावो मिशनरी आशिल्लो. १९३९ वर्सा थापणूक जाल्ले पिलार संस्थेचो तो संस्थापक. कांय काळ तो खानवेल (Khanwel) मिशनाचो अधिकारी आशिल्लो. उपरांत ताणें अंबरनाथ मिशन सुरू केलें. थंयचे फातिमा माध्यमीक शाळेचे उदरगतिखातीर जायतो वावर केलो. १९६२ वर्सा हे संस्थेचो 'सुपिरीयर जनरल' म्हूण ताका वेंचून काडलो. हे संस्थेंत ताणें १९६९ वर्सा मेरेन वावर केलो.

– सं. मं.

आल्तार : इग्रर्ज वा कपेलांतलो देवारो. असो ल्हान आकाराचो देवारो किरिस्तांव लोकांच्या घरांतय आसता. 'आल्तार' हें उतर पुर्तुगीज. उंचेली सुवात (वेदी) असो ताचो अर्थ जाता. देवारो हो सदांच उंचेले सुवातेरच करप जाता. इगर्ज वा कपेलांत तो खुपूच उंचायेर आसता. देवाची सुवात ही सदांच उंचेली सुवात आसची ह्या भावार्थान देवारो उंचायेर दवरप जाता.

इगर्ज वा कपेलाच्या मुखेल सभा घरांत, प्रवेश दारामुखावयले वण्टीर (सभाघराचे फाटले वण्टीर) आल्ताराची उभारणी करता. सर्वसादारणपणान कोरीव लाकडी आरस वणतभर सजोवन ताचेर मुखेल दैवताची (संत – सायबिणिची) मुर्ती आल्ताराच्या मध्यकाक बसयता. कुशिंनी परिवार संत – सायबिणिच्यो मुर्ती आसता. वणटीफुडें लाकडी



कठडो आसता. ह्या कठड्या फाटल्यान रावून धर्मगुरू प्रार्थना, उपदेश सारक्यो धार्मीक कार्यावळी करता. दिवे, मेणवाती, फुलां आनी हेर शिरंगार करपाची आल्तारार वेवस्था केल्ली आसता. गिरेस्त इगर्जिनी किंमती सामान (लाकूड, आरसे, धातू) वापरून आलतार सुशोभीत करतात. भोवतेक सगळ्याच व्हड इगर्जिनी भव्य - दीव्य आनी चकाचक आलतार आसात. अशो व्हड आकाराच्या आनी भावनीक अशें परिणामकारक दर्शन भाविकांखातीर एक सुखदेणें आनी पर्यटकांखातीर देखणें आकर्शण जाता.

– सं. मं.

आल्मां फेस्त (आल्मां दीस) : ख्रिश्चन धर्माचो एक धार्मीक विधी. घरांतल्या लागिंच्या नात्यांतल्या मर्ण आयिल्ल्या मनशांचे यादीक हो विधी (हो दीस) दर वर्सा २ नोव्हेंबराक मनयता. मर्ण आयिल्ल्यांच्या आत्म्यांचो परामस करपाचो हो दीस आशिल्ल्यान, ह्या दिसाक इंग्लिशींत 'ऑल सोल्स डे' अशेंय म्हणटात. 'आल्मां म्हणजे लॅटीन भाशेंत सोल (Soul = आत्मो). ह्या दिसा घरांतल्या मेल्ल्या लोकांचे आत्मे धर्तरेर येतात असो समज आसल्यान त्या दिसा सिमितेरिंतलीं तांचीं थडीं निवळ करून तांचेर फुलां ओंपतात. पाद्री थंय तांचेखातीर प्रार्थना करता. मेणवाती पेटयतात. ह्या काळांत मेल्ल्यां मनशांचे आत्मे आपापल्या घराक भेट दितात असोय समज आसा. तेखातीर घरांतले लोक खाशेलें आल्माचें जेवण रांदून तें मेल्ल्या मनशांच्या आत्म्यांखातीर घरा भायर पत्रावळ वा प्लेटींत दवरतात. जेवणा वांगडा उदक, विडी आनी सोरो दवरपाचीय रीत आसा. जेवणांत तेंडलीं, मेलगोर, काल्दीन, कडी (सांबाराची तशी जित्यां वा सुक्यां सुंगटांची) तशेंच वन्न, सोजी सारकीं गोडशींय आसता. इगर्जेंत, सेमितेरींत प्रार्थना (मीस) करता तशी घरांतय वाती पेटोवन रोजरी (प्रार्थना) करता. मेक्सिको देशांत आल्माचो दीस मनशाच्यो कवट्यो पुजून मनयतात. थंय अशो कवट्यो बाजारांत विक्रेक दवरतात. अशें केल्ल्यान आत्म्याच्यो सर्गांतलो प्रवेश आडखळी विना जाता अशेंय मानतात. मर्णाउप्रांत आपल्या आत्म्याखातीर आत्म्याचो दीस घरचीं मनयतलींच आसलीं, तरी जांच्या फाटल्यान लागिच्या नात्यांतलीं मनशां आसना वा आसलीं तरी तांची ऐपत उरलिना तर, फुडाराची पूर्व तयारी म्हणून कांय जाण, आपल्या मर्णाफाटल्यान आपल्या आत्म्यांखातीर आल्मांचो दीस मनोवपाच्या खर्चाखातीर म्हणून कांय संपत्ती (पयसो - अडको, जमीन-जुमलो) राखून दवरता. ताचे वरवीं ताच्या आत्म्याखातीर ताचो वारसदार मागीर आल्मांचो दीस मनयता. जर अशी वेवस्था करूनय आल्मांचो दीस मनोवप जालो ना, तर त्या मनशाच्या आत्म्याचो शाप लागता आनी ती दवरिल्ली संपत्ती मनशाक पचना अशें समजता.

मेल्ल्या मनशाच्या आत्म्याच्या अस्तित्वासंबंधीं सगळ्याच धर्मांनी विस्वास दवरला. तशेंच ह्या आत्म्यांक शांत करपाक वा तांकां आनंद दिवपाक तांचेखातीर वर्सांतल्यान थारावीक काळ थारायला. हिंदू धर्मांत दर वर्सा मेल्ल्या मनशाचे मर्णतिथीक स्राद्ध वाडपाची प्रथा आसा, ह्या दिसा घरांत गोड - धोड करता. भटाक आफोवन देवस्पण करता. देवाक तशें मेल्ल्या मनशाच्या नांवान कोणाकय आफोवन जेवण - खाण तशें वस्त्र भेटयता. दादल्याच्या आत्म्याखातीर दादल्याक आनी बायलेच्या आत्म्याखातीर बायलेक आफयता (रावयता). भुरग्याच्या आत्म्याखातीर

भुरग्याक रावयता. हांकां 'रावयल्ले' म्हण्टात. सवायशीण बायलेच्या आत्म्याखातीर घोव–बायलेचे जोडें रावयता.

दर वर्साच्या स्राद्धा वांगडाच हिंदू लोकांमदीं सर्वपित्री आमासेक (भाद्रपद – आमास), आतांमेरेन मरण आयिल्ल्या सगळ्याच मनशांच्या आत्म्यांक, एकत्रितपणान याद करपाचो धार्मीक विधी करता.

कांय कारणाक लागून मर्णतिथीक स्राद्ध करपाक मेळ्ळें ना तर सर्वपित्री आमासेक स्राद्ध वा अमान्य वाडपाचो विधी करता... हो विधी वर्सुकी स्राद्ध सारकोच आसता.

मेल्ल्या मनशांच्या आत्म्यांक संतुश्ट करपाचे कल्पनेंतल्यान हो धार्मीक विधी करप जाता आसलो तरी त्या निमतान, घरचीं सगळीं एकठांय येता, परब मनयता आनी मेल्ल्यांची याद करता. हे क्रियेंतल्यान कुटुंबीक ऋणानूबंध निर्माण जाता. कुटुंबीक नातें घट जाता हो उद्देशय तितकोच म्हत्त्वाचो आसा.

– सं. मं.

आल्मैदा, आनास्तासिओ तोमाझीनु बारनाबे द : (जल्म : १२ जुलय, १९२९ वेळ्ळी साश्टी, मरण : २५ मे १९७८ वेळ्ळी)

गोंयचो सुटके झुजारी. बापाचें नांव कायतानु आल्मैदा. ताणें बी. ए. मेरेन शिक्षण घेतलें, तशेंच पत्रकारितेचोय अभ्यास केलो. १९५० वर्सा मुंबय प्रजासमाजवादी पक्षान आयोजीत केल्ले विद्यार्थी चळवळींत ताणें वांटो घेतिल्लो. १९५३ वर्साचे सुरवेत तो 'नॅशनल काँग्रेस' – गोंय संघटनेचो वांगडी जालो. १९५४ वर्सा तो हे संघटनेचे मुंबय शाखेचो चिटणीस जालो. उपरांत उरसेलीनु आल्मैदा आनी फेलीक्स आल्मैदा हांचेवांगडा ताणें कलकत्याक 'नॅशलन काँग्रेस' – गोंय हे संघटनेची शाखा सुरू केली. उपरांत ताणें आपले नोकरेक सोडचीट दिवन तो गोंयां आयलो आनी राजकीय वावर करूंक लागलो. १५ सप्टेंबर १९५४ दिसा ताका ताच्या वेळ्ळीच्या घरांत धरलो. उपरांत प्रादेशीक लश्करी दंडाधिकाऱ्यामुखार ताची चवकशी जावन ताका आठ वर्सां खर बंदखणची ख्यास्त फर्मायली. आग्वाद बंदखणींत आसतना तो निरक्षर कैद्यांखातीर वर्ग घेतालो.

सप्टेंबर १९५८ वर्सा तांची बंदखणिंतल्यान सुटका जाली. गोंय सुटकेउपरांत तो समाजीक आनी राष्ट्रीय वावर करूंक लागलो. १९६२ वर्सा ताणें मडगांव शारांत पयली 'एम्प्लॉईज काँग्रेस' (Employees

Congress) सुरू केली. तशेंच ताणें हॉटेल कामगार संघटना, वैपारी कामगार संघटना आनी छापखानो कामगार संघटना सुरू केल्यो. भारत सरकारान ताम्रपत्र दिवन सुटके झुजांतल्या ताच्या वावराचो भोवमान केलो.

– सं. मं.

आल्मैदा, मिंगेल द्. एस्. जे. : (जल्म : १६०७, गोव्हेय – पोर्तुगाल, मरण : १७ सप्टेंबर १६८३, रायतूर – गोंय)

नामनेचो कोंकणी धर्मशास्त्री, साहित्यीक आनी भाशाशास्त्री. १२ सप्टेंबर १६२५ दिसा ताणें जेजुइत पंथाची दिक्षा घेतली. सुर्वेक आल्मैदा, गोंयांत, साश्टी वाठारांत धर्म उपदेशक म्हण आयलो. उपरांत चिखलिचो पाद्र व्हिगार जावन निमाणें गोंयच्या सां पावल कॉलेजिचो मुखेली जालो.

ताणें 'सेर्मोइश दुश सान्तुश इ द् तेम्पु कारेस्माल' (Sermoes dos santos e De Tempo Quaresmal), 'सिंकु प्रातिकाश सोब्रि अश पालाव्ड्राश एक्सुजेंस मारीया' (Cinco Praticas Sobre as Palavras Exuvgens Maria) आनी 'वनवळ्यांचो मळो' (Onvalleancho Mollo - १६५८) अशे ग्रंथ बरयले. पांच खंडांनी आशिल्लो, 'वनवळ्यांचो मळो' कोंकणी गद्याचो एक अप्रूप असो नमुनो. पयल्या खंडांत ५५७ पानां आसात. तिसरो आनी पांचवो खंड पणजेच्या सेंट्रल लायब्ररींत आनी लायब्ररी ऑफ द स्कूल ऑफ ओरियन्टल अँड आफ्रीकन स्टडीज – लंडन हांगा मेळटा. दुसऱ्या आनी चवथ्या खंडांची माहिती मेळना. तातूंत जायते सेर्माव आसात. ताच्या ग्रंथांत जायतीं पोर्तुगेज उतरां होलमतात. देखीक – सासेरदोत, प्रोपेत हे ग्रंथ ताणें कोंकणी – पोर्तुगेज भाशेच्या वाचकांक अर्पीत करून तांतूत तीन नंदनवनाचो (Garden ols Heaven) उल्लेख आसा. आल्मैदाच्या मता तीन नंदनवना म्हळ्यार स्वर्गांतलें उद्यान, इडनचे उद्यान आनी कॅथलिक चर्च अशी आसात. ह्या मुखेल प्रबंधांत ताणें क्रिश्चन तत्वगिन्यानाचेर भर घातला तशेंच कांय प्रवचनांय बरयल्यात. ताणें, आपल्या लिखाणांत पोर्तुगेज, मराठी शब्द वापरल्यात.

'व्हाँकोबुलारियु द लिंग्व कानारीं ॲ व्हेरसांव पर्तुगेज' (Vocabulario da lingua Canarim em Versam Portuguesa) हो शब्दकोश ताणें आनी पाद्री आंतोनियु साल्दान्य हाणें तयार केल्लो अशें म्हणटात. रोम आनी लिश्बोअ हांगा आशिल्ली पोर्तुगेज लिपिंतली कोंकणी उतरावळ 'व्हॉकाबुलारियु कानारीं काँ आल्फाबेतु पुतुगेज' (Vocabulario, Canarim Com Alphabeto Portugues) आनी कोंकणी भाशेची उतरावळ 'व्हॉकाबुलारियु दा लिंग्व कानारी ह्यो दोनूय उतरावळी आल्मैदा आनी साल्दान्य हाणें बरयल्यो अशें म्हणटात. १९७३ वर्सा व्हाकाबुलारियु द लिंग्व कानारीचो चित्र–प्रत उजवाडाक आयली.

– सं. मं.

आल्मैदा, फा. मेथ्यू : (जल्म : २९ सप्टेंबर १९३५ कुंदापूर, कर्नाटक. मरण : १८ फेब्रुवारी २००९ पर्वरी, गोंय.)

एक कोंकणी संशोधक खांपो, लेखक आनी थोमस् स्टिफन्स कोंकणी केंद्राचो संस्थापक संचालक. धारवाडचे कर्नाटक विद्यापिठांत ताणें एम. ए. करून, ताणें बॉम्बे विद्यापिठांत एम. एॅड. केलें. तशेंच ताणें

वॉशिंग्टनच्या जॉर्ज टावन विद्यापिठांत एम. एस. शिक्षण पुराय करून ह्याच विद्यापिठांत भाशाशास्त्राची डॉक्टरेट जोडली.

१२ जुलय १९५२, हे दिसा तो जेजुईत संस्थेंत भितर सरलो. आनी २४ मार्च १९६५, हे दिसा ताका पाद्री म्हण मान्यताय मेळली. पुणेच्या सेंट. व्हिन्संट हायस्कूल आनी म्हापशें – गोंय हांगाचे सेंट. ब्रिटो हायस्कुलांत ताणें प्राचार्य आनी रॅक्टर म्हूण काम केलां. मिरामार – पणजेच्या लॉयला हॉलाचो तो वरिश्ट आसलो.

थोमस स्टिफन्स कोंकणी केंद्राचो तो संस्थापक वांगडी आनी संचालक आसलो. १९८५–२००२ मेरेन ताणें हें संचालक पद सांबाळलें. हे संस्थेंतल्यान



उजवाडाक येवपी 'संशोधनात्मक नियकाली सोद' आनी 'दर म्हयन्याची रोटी' ह्या म्हयन्याळ्याचो तो संपादक आसलो. ताची वेगवेगळ्या विशयावयलीं १३ पुस्तकां उजवाडाक आयल्यात. तातूंत, भासशास्त्र, साहित्यशास्त्र आनी शिक्षण शास्त्रावयलीं पुस्तकां आसात. 'अ डिस्क्रिप्शन ऑफ कोंकणी' आनी 'रोमी लिपयेंत कोंकणी कोर्स' हीं तागेलीं दोन मोलादीक पुस्तकां आसात. ते भायर, देशी – विदेशी नियतकालीकांनी ताचें संशोधनात्मक लेख प्रसिद्ध जाल्यात. थोमस् स्टिफन्स कोंकणी केंदावतीन घडजोवन हाडिल्ल्या शिक्षणीक आनी हेर उपक्रमांक ताचें मोलाचे मार्गदर्शन मेळलां. गोवा कोंकणी अकादमीचो साहित्य प्रज्ञा पुरस्कार ताका २००८ त फाव जालो.

– सं. मं.

आल्मैदा, मान्युएल फ्रासिश्कु रोझारियो द: (जल्म : चिंचोणे – गोंय)

किरिस्तांव धर्म फुडारी. १८५० ते १८७० वर्सां तो माकाव वाठारांत मिशनरी म्हूण आशिल्लो. आवय – बापायन विकिल्ल्या भुरग्यांक ताणें किरिस्तांव धर्माची दिक्षा दिल्ली. तांकां बरी देख लावन तो नोकरेक लायतालो. चीन देशांत रोगाची धाम आयली, तेन्ना शेंकडच्यांनी चिनी लोकांक ताणें हॉस्पिटलांत घाले आनी तांची जतनाय घेतली. चिनी लोक तांकां गरिबांचो बापूय म्हूण वळखतात.

– सं. म.

आल्मैदा, शशिकला : (होडारकार, शशिकला मंगेश)

(जल्म : २३ जून १९३१ फोंडें)

गोंयची एक सुटके झुजारी. घोवाचें नांव आनास्तासिओ आल्मैदा. तिणें बी. ए. मेरेन शिक्षण घेतलें. ती नोकरी करताली. सिंधुताई देशपांडे

हिचेकडच्यान स्फूर्त घेवन २५ नोव्हेंबर १९५४ दिसा पणजे जावपा आशिल्ल्या सत्याग्रहांत तिणें वांटो घेवपाचें थारायल्लें. पूण सिंधुताई मडगांव तिच्याच घरांत राविल्ल्यान पोलिसाची खर नदर तिच्या घराचेर आशिल्ली. देखून तिका सत्याग्रहांत वांटो घेवंक मेळ्ळो ना. उपरांत १७ फेब्रुवारी १९५५ ह्या दिसा तिणें विलासिनी प्रभू हिचे वांगडा हातांत राष्ट्रीय बावटो घेवन सत्याग्रहांत वांटो घेतलो. तेन्ना पोलिसांनी तिका धरली आनी स वर्सां बंदखणिची ख्यास्त फर्मायली. मार्च १९५८ त तिची बंदखणिंतल्यान सुटका जाली. १८ जून १९८६ ह्या दिसा गोंय सरकारान तिच्या सुटकेझुजांतल्या वावराचो भोवमान केलो.

– सं. मं.

आल्वा, जोकीम : (जल्म : २१ जानेवारी १९०७ – मुडुबेळ्ळी – कर्नाटक मरण : १८ जून १९७९)

कर्नाटकांतल्या उडुपी जिल्ल्यांतल्या मुडुबळ्ळी गांवांत जल्मल्लो एक स्वातंत्र्यसैनीक आनी राजकारणी. ताच्या बापायचे नांव पियाद आनी आवयचें नांव आन्नी आसलें. सात भावंडांमदलो जोकीम हें चवथें भावंड. घरकान्निचें नांव व्हायलेट आल्वा. तांकां दोन चले आनी एक चली आसा. सद्याच्या राजकारणांतली व्हड नामनेची बायल राजाकरणी श्रीमती मार्गारेट आल्वा ही तांची व्हडली सून. मंगळुरच्या सँट लुईस हायस्कुलांत इंटरमेरेनचे शिकप घेवप जोकीम हाणें फुडलें पदवी (बी. ए.) मेरेनचे शिकप मुंबयच्या एलीफस्टन कॉलेजींत आनी कायद्याचें शिकप सरकारी कायदो कॉलेजिंतल्यान घेवन वकिली सुरू केली.

वकिलिचो वेवसाय करतानाच ताणें ते वेळार चालू आशिल्ले स्वातंत्र्य चळवळींत वांटो घेतलो. १९२८त, मुंबयचे 'स्टुडंट ब्रदर हूड' नांवाचे संघटणेचो तो कार्यदर्शी जालो. तेवेळार देशभर चालू आशिल्ले सायमन कमिशन बहिश्कार चळवळिचें मुंबयच्या फांट्याचें ताणें फुडारपण केलें. स्वातंत्र्य चळवळिच्या ताच्या सहभागाखातीर ताका तीन वर्साची बंदखणय जाली. ताची घरकान्न व्हायलेट आल्वा हिच्या सांगातान ताणें 'घोरम' नियत कालीक उजवाडाक हाडटालो. तातूंत बरयल्ल्या राश्ट्रीय विशयांवयल्या लेखांखातीर ताका सरकारी उपद्रवाक तोंड दिवचें पडटालें.

जोकीम आनी व्हायलेट आल्वा दांपत्याचेर पोस्ट खात्यान काडिल्लो स्टँप.

देशाक स्वातंत्र्य मेळलेउप्रांत तो मुंबयचो शेरीफ जालो. १९५२–१९६२ ह्या दशकांत तो उत्तर कन्नड जिल्ल्याच्या मतदारसंघांतल्यान तीन फावट लोकसभेचेर खासदार म्हणून वेंचून आयलो. १९६८ त ताची राज्यसभेचो वांगडी म्हणून निवड जाली. १९७४ त ताणें राजकीय निवृत्ती घेतली.

जोकीम आल्वा आनी ताची घरकान्न व्हायलेट

आल्वा हीं घोव - बायल (दांपत्त्य) एकाच वांगडा १९५२ त अनुक्रमान लोकसभा आनी राज्यासभेचीं वांगडी जाल्ल्यान, भारतीय पार्लमेंटी इतिहासांतलें पयलें दांपत्य म्हणून तांची नोंद जाल्या. तशेंच व्हायलेट आल्वा हिच्या जल्म शतकाच्या निमतान, भारत सरकारान २००८ वर्सा तांच्या नांवाचो पोस्टाचो स्टँप काडला, तशेंच तांच्यो दोगांच्योय तसबिरी (फोटवाचीं पांयजेला) लोकसभेच्या सेंट्रल हॉलांत, लोकसभेचे सभापती श्री. सोमनाथ चटर्जी हांचे हस्तुकी लावन तांचो राश्ट्रीय भोवमान केला.

- डॉ. गीता शेणै

आल्वा, मार्गारेट : (जल्म : १४ एप्रील १९४२ - शिर्वा - कर्नाटक)

एक प्रमूख कोंकणी राजकारणी बायल. भारतीय राजकारणांत उच्च पांवड्यार ज्यो अवघ्योच बायलो कार्यरत आसा तातूंत मार्गारेट आल्वाचो आस्पाव जाता. बापायचे नांव पि. ए. नाझारेथ आनी आवयचें एलिझाबेथ नाझारेथ. बेंगळुरच्या माऊंट कार्मेल कॉलेजिंतल्यान बी. ए. ची पदवी घेतलेउप्रांत, सरकारी कायदो म्हाविद्यालयांतल्यान एल. एल. बी. ची पदवी घेवन वकिली वेवसायाक सुरवात केली.

मार्गारेट हिणें म्हाविद्यालयांत आसतानाच सार्वजनीक वावराक सुरवात केल्ली. थंय शिकताना ती ऑल इंडिया कॅथोलीक युनव्हर्सिटी फेडरेशनची (एआयसीयुएफ) सेक्रेटरी (१९६१) आनी सरकारी कायदो म्हाविद्यालय विद्यार्थी संघटनेची सहकार्यदर्शी (१९६३-६४) जाली. १९६१ त तिका माऊंट कार्मेल कॉलेजिचो बेस्ट ऑल राऊंड विद्यार्थी म्हणून वेंचून काडली.

२४ मे १९६४ दिसा मार्गारेट हिचें लग्न जोकीम आनी व्हायलेट आल्वा हांगेलो पूत आनी सर्वोच्च न्यायालयाचो वकील निरंजन हाचेकडेन जालें. मार्गारेट आनी निरंजन हांका चार भुरगीं. एक धूव आनी तीन पूत.

मांय - मांवाची राजकीय फाटभूंय लाबिल्ले मार्गारेट हिणें, वकिली करतानाच राजकारणांत प्रवेश केलो. १९७२-७३ काळांत ती 'कर्नाटक प्रदेश कॉंग्रेस महिला फ्रंटा'ची निमंत्रक जाली. १९७४-८०, १९८०-८६, १९८६-९२, १९९२-९८ अशो चार खेपो आनी सुमार १८ वर्सांच्या कालखंडांत तिका राज्यसभेचें वांगडीपद मेळलें.

ह्याच कालखंडांत, तिच्या वावराची कुवत वळखून तिका विदेशी वेव्हार राज्यमंत्री (१९८४-८५) युवा वेव्हार, खेळ, महिला आनी भुरगीं कल्याण राज्यामंत्री (१९८५-८९), व्यक्तीगत आनी सार्वजनीक तक्रार राज्यमंत्री (१९९१, १९९३-९६) हीं म्हत्वाचीं पदां प्राप्त जालीं. तेच वांगडा कॉंग्रेस पक्षाच्या कारभाराच्यो जापसालक्यो तिचेर घाल्यो. कॉंग्रेस पार्लमेंटरी पक्षाच्यो निमंत्रक आनी खबर आनी प्रसारण समिती वांगडीपद (१९७५-७६), ऑल इंडिया कॉंग्रेस

समिती जॉईंट सेक्रेटरी (१९७५-७७), कर्नाटक प्रादेशीक काँग्रेस समिती जनरल सेक्रेटरी (१९७८-७९), महिला काँग्रेस राश्ट्रीय निमंत्रक (१९८३-८८) आनी हेर म्हत्त्वाचीं पदां तिणें सांबाळ्ळ्यात. राजकी पक्षीय जापसालक्यावांगडाच तिणें सामाजीक विशयांसंबंधीत नॅशनल चिल्ड्रन मंडळ वांगडी (१९७१-७८), नॅशनल चाईल्ड लेबर समिती वांगडी (१९७९), सेंट्रल युथ अॅडवायजरी मंडळ वांगडी (१९७६-७७), आनी 'करूणा' नांवाचे बायलां संबंधीत, बीन सरकारी संस्थेची संस्थापक अध्यक्ष म्हणून वावर केला.

बायलांचें सबळीकरण ह्या वावरांत तिचें खाशेलें योगदान आसा. स्त्री हक्क, लग्न - नेम, बायल - दादलो समान वेतन, थळाव्या स्वराज्य संस्थांनी बायलांक आरक्षण अशा विशयांसंबंधीत कायद्यांची निर्मिती आनी अंमलबजावणी करपांत तिचें म्हत्त्वाचें योगदान आसा. दक्षीण कोरियाच्या सियोल वाठारांत जाल्ल्या यू. एन्. एक्स्पर्ट ग्रुप बसकेंत 'वुमन इन डिसीजन मेकींग' ह्या आंतरराश्ट्रीय परिसंवादांत मार्गारेट हिणें भारताचे प्रतिनिधित्व केल्लें.

मार्गारेट आल्वा हिच्या राजकीय तशें सामाजीक वावराचो भोवमान जायत्या संस्थांनी केला. म्हैसूर विदायपिठान तिका मानद डॉक्टरेट प्रदान केल्या. तेभायर, महिला शिरोमणी पुरस्कार (१९९१), राजीव गांधी एक्सलेंस पुरस्कार (१९९१), टी. एम्. ए. पै फौंडेशनाचो गौरवी कोंकणी मनीस पुरस्कार (१९९१), दक्षीण आफ्रिकेचो अध्यक्ष थाबो मनेकीले सन्मान (२००३), नेल्सन मंडेला पुरस्कार आनी हेर पुरस्कार तिका प्राप्त जाल्यात..

— डॉ. गीता शेणै

आल्वा, व्हायलेट : (जल्म : २४ एप्रील १९०८ अहमदाबाद - गुजरात, मरण : १९६९)

राजकारण, पत्रकारिता आनी समाजकारणांत उंचेल्या पांवड्यार कार्य केल्ली कोंकणी बायल. तिचो जल्म अहमदबादांत जालो. बापायचे नांव रेव्हरंड लक्ष्मण हरी आनी आवयचें नांव मनोरमा हरी आसलें. मुंबयच्या सरकारी कायदो म्हाविद्यालयांत तिणें एल्. एल्. बी. चें शिकप घेतलें. म्हाविद्यालयांत शिकताना तिचो जोकीम आल्वा हाचेकडेन परीचय जावन, उप्रांत २० नोव्हेंबर १९३७ दिसा तांचें लग्न जालें.

लग्न जाले उप्रांत, तिणें घोव जोकीम आल्वाच्या सांगातान वकिली सुरू केली. ती करतानाच घोवाच्या पावलार पावल दवरून स्वातंत्र्य चळवळींतय घोवा वांगडा वावर केलो. तो करपाक सोपें जावचें म्हणून 'इंडियन वुमन' नांवाची पत्रिका सुरू केली. राजाकरणा वांगडाच सामाजीक, सांस्कृतीक कार्यांतय तिचें योगदान आसा. अखिल भारतीय ख्रिश्चन कन्फरन्सचें उपाध्यक्षपण, मुंबयच्या प्रोव्हिनसीयल कौन्सिलचे वांगडीपण, अखिल भारतीय वृत्तपत्रिका संपादनाच्या अधिवेशनाचें अध्यक्षपण, मेक्सीको हांगा १९६२ त भरिल्ल्या आंतरराश्ट्रीय बायल - वकील संमेलनाचें अध्यक्षपण, हीं तिणें सांबाळिल्लीं कांय पदां आसात.

१९५२ त तिची मुंबय सावन राज्यसभेची वांगडी म्हणून निवड जाली. तिका राज्यसभेचें उप-सभापतीपदय फाव जालें. हें पद घेवपी ती पयली बायल मनीस आसा.

व्हायलेट आल्वा आनी तिचो घोव ज्योकीम आल्वा एकाच वेळार पार्लमेंटांत (राज्यसभा आनी



जोकीम आनी व्हायटेल हांचो फोटो लोकसभेच्या सेंट्राल सभाघरांत लायताना प्रधानमंत्री डॉ. मनमोहन सिंग

लोकसभा) पाविल्लीं. पार्लमेंटांत पाविल्लें पयलें दांपत्य म्हणून, व्हायलेट आल्वा हिच्या जल्मशताब्दी वर्सा (२००८) भारत सरकारान तांच्या नांवाचो पोस्टल स्टँप काडिल्लो. तशेंच ह्या दांपत्त्याचो फोटू लोकसभेच्या सेंट्रल सभाघरांत लावन तांचो भोवमान केला.

– डॉ. गीता शेणै

आल्वारीस, अरमांदु : (स्वामी अनिमानंद)

(जल्म : १९०३ बेळगांव, मरण : १९८४)

एक गोंयकार किरिस्तांव धर्मफुडारी. ताणें राशोल सेमिनारींत शिक्षण घेतलें. बेळगांवच्या वाठारांत ताणें लिंगायतांमजगतीं धर्मप्रचार केलो. ताणें भारतीय मठवासी जीवनपद्धत आपणायली. ताणें देसूर हांगा पुर्विल्ल्या हिंदू देवळांच्या शैलीप्रमाण एक इगर्ज बांदली.

– सं. मं.

आल्वारीस, पीटर : (जल्म : ३१ मार्च १९०८, पर्रा – बारदेस, गोंय, मरण : ६ मे १९७५)

आल्वारीस पीटर हांचें पुराय नांव पीटर आगुस्तस जॉन आल्वारीस. ताच्या बापायचें नांव आगुस्तस जॉन व्हिंसेत आल्वारीस.

भारताचे सुटकेझुजांत वांटो घेवचे पासत ताणें पोर्ट ट्रस्ट ऑफ इंडिया हांगाची नोकरी सोडली.

१९४२ वर्सा 'भारत छोडो' ह्या चळवळींत

ताणें वांटो घेतलो. देखून, दोन वर्सां ताका बंदखणिची ख्यास्त जाली.



गोंय सत्याग्रह चळवळिच्या निमण्या काळांत, ताणें गोंय विमोचन सहाय्यक समितिची थापणूक केली. १५ ऑगस्ट १९५५, दिसा सत्याग्रहांत वांटो घेवंक जाणें पुराय भारतांतले पांच हजार सत्याग्रही एकठांय केले. २६ जानेवारी १९५५ दिसा ताणें सत्याग्रही लोकांचो एक पंगड घेवन कॅसलरॉक वाठारांत सत्याग्रह केलो. ताका लागून पोर्तुगेज पुलिसांनी ताचेर आरोपपत्र दवरलें आनी १८ वर्सां बंदखणिची खर ख्यास्त दिली.

पीटर आल्वारीस एक खांपो, समाजवादी आशिल्लो. ताणें संयुक्त महाराष्ट्र चळवळींत वांटो घेतिल्लो आनी ख्यास्त भोगिल्ली.

मुंबयसावन उजवाडाक येवपी 'जनता' ह्या सातोळ्यांत पीटर आल्वारीस हाचें बरप उजवाडाक येतालें. ताचें चडशें बरप अर्थीक घडणुकांचेर आसतालें.

'ग्रेट इंडियन पेनिनस्यूलर' (जीआयपी) रेल्वे पंचायत आनी हेर भारतीय रेल्वेच्या संघटनाचो तो संस्थापक आसल्लो. १९५६ वर्सां, नागपुरांत भरिल्ल्या अधिवेशनांत 'अखिल भारतीय रेल कामगार महासंघ' (All India Railwaymen's Federation) हाचो सहाय्यक सरचिटणीस म्हूण ताची नेमणूक जाली. उपरांत तो अध्यक्ष जालो. १९४९ वर्सा, तो मुंबयचे विधानसभेंत पयलो ट्रेड युनीयन फुडारी म्हूण वेंचून आयलो. फुडें तो 'इंडियन नॅशनल कॉंग्रेसीत' आयलो. आनी 'कॉंग्रेस सोशलिस्ट पार्टी' पंगडाचो वांगडी म्हूण वेंचून आयलो. १९५३ ते १९५५ मेरेन तो 'नॅशनल कॉंग्रेस' – गोंय संघटनेचो उपाध्यक्ष आसलो.

गोंय सुटके उपरांत १९६३ वर्सा जाल्ले पयले वेंचणुकेंत उत्तर गोंयचो खासदार म्हूण वेंचून आयलो. जयप्रकाश नारायण हाच्या 'जनता' चळवळिची स्फूर्त घेवन ताणें बिहारचे चळवळींत व्हड उमेदीन वांटो घेतलो. १९ जून १९८४ दिसा, गोंय सरकारान पीटर आल्वारीस हाचो मरणोत्तर भोवमान केलो.

– सं. मं.

आल्वारीस, सेलेस्तिन्यु (सी. आल्वारीस) : (जल्म : २१ ऑगस्ट १९२०, साळगांव – बार्देस)

नामनेचो गोंयकार तियात्रीश्त (नाट्य कलाकार). ताच्या बापायचें नांव कायतान आल्वारीस, जो खासा एक तियात्रीश्त आशिल्लो. साळगांव वाठारांतल्या सरकारी मुळावे शाळेंत ताणें पोर्तुगेज प्रिमैरू ग्राव मेरेन शिक्षण घेतलें. उपरांत थंयच्या एका हायस्कुलांत तेन्नांचे चवथी यत्ते मेरेन शिकप केलें. विनोदी कलाकाराची भुमिका करपाक फाव आशिल्ले गूण घरचे परंपरेक लागून ताच्या आंगांत भुरगेपणांतूच आयिल्ले. पिरायेच्या सातव्या वर्सा (१९२७) ताच्या बापायन बरयल्ल्या 'म्हजी घरकान्न' ह्या तियात्रांत ताणें पयले खेप माचयेर पावल दवरलें. उपरांत ताचेकडल्यान स्फूर्त घेवन ताणें स्वताच तियात्र बरोवंक सुरवात केली.

आतांमेरेन ताणें सुमार ७८ तियात्र बरयल्यात. 'म्हजी व्हनी', 'चोर वो तियात्रीश्त?', 'आतांच्यो सुनो,' 'मावोडेचें सूट,' 'वजें' हे ताणें भुरगेपणांत बरयिल्ले तियात्र भारतांत तशेंच भारताभायर गाजल्यात.

'जोडगीत' (duet) हो गिताचो एक प्रकार, जो सी. आल्वारीस हांकां लागुनूच लोकप्रीय जालां अशें म्हणूं येता. ताणें मिस मोहना, ऑफेलिया, आंतोनेत, फिलोमेन, बॅटी हांचे वांगडा गायिल्लीं जोडगितां बरींच गाजल्यात.

मुंबयच्या सिने टायम्सान घेतिल्ले सर्तींत ताका सतत चार वर्सांमेरेन बऱ्या अभिनयाखातीर पयलें इनाम मेळ्ळां. राष्ट्रीय पांवड्याचेर भारत सरकारान घेतिल्ले १९६६ वर्साचे सर्तींत बऱ्या अभिनयाखातीर आदल्यो प्रधानमंत्री सर्गेस्त श्रीमती इंदिरा गांधी हिचेकडच्यान पुरस्कार मेळ्ळो. ते भायर हेर कितलिंशींच इनामां ताणें जोडल्यात.

ताणें बरोवन सादर केल्ल्या कांय तियात्रांचीं नांवां अशी आसात – 'केन्ना उदेतलो तो दीस', 'आवयचो शिराप', 'म्हजो सोपूत', 'जुरामेंत,' 'गोंयचो मोग', 'मस्तेपण', तेभायर ताचें 'निर्मोण' आनी 'म्हजी घरकान्न' हे चित्रपट बरे गाजल्यात. 'भुयारांतलो मनीस' ह्या चित्रपटांत ताणें मुखेल भुमिका केल्या आनी चित्रपटाच्या मळार आपलें नांव दवरलां.

– सं. मं.

आलप्पुषा : केरळांतलो एक प्रमुख जिल्लो आनी ताचें प्रमूख नगर. पोरण्या काळांत आलप्पुषा तिरुवितांकूर प्रदेशाचें व्हड बंदर आशिल्लें. धर्मराजा म्हण उपनांवान वळख घेवंचो कार्तिकतिरुनाळ रामवर्मा रायाले कारकिर्दीत, ताचो दिवाण केशवदास हाणें हें नगर निर्माण केलें. आलप्पुषा प्रदेशाच्या विकासा खातीर ताणें भारताच्या भिन्न भिन्न प्रदेशांतल्या वेपाऱ्यांक आलप्पुषा नगरांत हाडून तांका वसाहत दिली आनी वेपाराक पालव दिवंचे खातीर तांकां गोदाम आनी मांड तयार करून दिले. आलप्पुषा नगर ई. १७६२ वर्सा सांवन विकासाचे वाटेर आशिल्लें. वेपार सोय करपा खातीर ई. १८६२ वर्सा हांगा ३०५ मीटर लांब आशिल्लो समुद्रांत एक सांकव बी बांदलो. पश्चिमी तटावयलो पयलो दीपस्तंभ (ई. १८६२) ह्याच नगरांत निर्माण जालो. हाची निर्मिती पश्चिमी वास्तुशिल्पाचो आदार घेवन न्यू क्राफोड नांवाच्या मनशान केली. रस्ते आनी नाले निर्माण करून माल हाडपाचें आनी व्हरपाची सोपी सोय केली. मुंबय कलकत्ता आदी बंदरा मदीं वेपार करूंक नवीं नवीं तारवां निर्माण केलीं. नगराच्या उत्तर दिशेर एक किल्लो बांदलो. अशें तरेकवार नाले, तांचेर निर्माण केल्ले. सांकव, सैमाची सोबितकाय वेपाराचें आनी वाणिज्याचें केंद्र आशिल्ल्या आलप्पुषा नगराचें 'प्राचीवयलें वेनीस' (पुर्वेकडलें व्हेनीस) म्हण नांव जालें. दोर, खोबरें, मिरीं, सूंट, एळ, रबर,

काजूबी, च्या आनी हेर माल विकपाचें हें बंदर कालान क्रमान देशांत-विदेशांत नामनेचें जालें. हें केरळांत जलमार्गाचें उत्तम केन्द्र हेंच नगर आशिल्लें. तिरुवितांकूर प्रदेशाचें पयलें डाक कार्यालय ह्याच नगरांत सुरू जालें. पषवङ्ङाडि, पुत्तनङ्ङाडि, मुल्लय्क्कल, गुजरातित्तेरूव हीं नगरांतलीं मुखेल व्यापार केंद्रां आसलीं. हिंदू, मुस्लीम, क्रिस्तांव धर्माचीं देवस्थानां हें हांगाचें एक खाशेलेंपण आसा.

आलप्पुषा धावे शेंकड्यांत बौद्धधर्माचें म्हान केंद्र आसलें. हाचे तटप्रदेशांत बुद्धदेवाच्यो अनेक मुर्ती सोदून काडल्यात. 'श्रीमूलवासम' (ई. ८८५-९२५) नांवाच्या प्रदेशांत बौद्धधर्म कायम आशिल्लो. भरणिक्काव, मावेलिक्करा करुमाडी बी प्रदेशांत बुद्धदेवाच्यो ज्यो मूर्ती आसात तो हाचो पुरावो आसा. करुमाडींत बुद्धदेवाची एक प्रसिद्ध प्रतिमा आसा. ताका करुमाडिक्कुट्टन म्हणटात. गांधार देशांतल्या सोदांत मेळ्ळी बुद्धदेवाची मूर्तिची 'दक्षिणापथे मूलवास लोकनाथ' म्हणपाची बरपावळ श्रीमूलवासम प्रदेशाचीं म्हत्व उकतें करता. आलप्पुषा जिल्ल्यांत 'कुट्टनाड' व्हड म्हत्वाचो प्रदेश. ह्या प्रदेशाक 'केरळत्तिन्टे नेल्लरा' (केरळदेशाचें भाताचें कोठार) म्हणटात. म्हाभारत युद्धांत हांगा थावन भात धाडून दिल्लें म्हण जन सांगतात. हो करुमाडिक्कुट्टन आशिल्लो प्रदेश. देखून हाचें नांव कुट्टनाड. हांगा खूब सरोवरां आनी न्हंयो आसा. म्हाभारतांतलो खंडवदाह (खांडववन) हांगा जालो म्हण जन म्हण्टात. हांगा केल्ले सोदांत जमनिंतल्यान व्हड व्हड इंगळ्याचे फातर मेळ्ळे. हे खांडवदाहाच्या उज्यांत जळून गेल्ल्या व्हड व्हड रुखांचे इंगळे असो हांगा समजा आसा. हांगाचें श्री गोपालस्वामी देवस्थान प्रसिद्ध आसा. पुन्नप्रा आनी वयलार प्रदेश ह्या जिल्ल्यांत आपली आगळी वेगळी प्रसिद्धी घेवन आसात. हे दोनूय प्रदेश कामगारांचे क्रांतीचो इतिहास सांगतात. 'अरवुकाडुक्षेत्रम' पुन्नप्रा प्रदेशांत प्रसिद्ध म्हणटात. हांगा देविचें देवूळ आसा. देवी दुर्गा म्हणूनच, लक्ष्मी म्हणूनय, सरस्वती म्हणूनय तिका वळखतात.

नुस्तें (मासळी) धरचो आनी विकचो आलप्पुष्पा जिल्ल्यांतलो मुखेल वेवसाय. पावसाळ्यांत सगळ्या केरळांत नुस्तें मेळना तेन्ना पुन्नप्रा पंचायतांत नुस्तेमारी चलता. ह्या काळांत हांगा समुद्र शांत आशिल्ल्यान नुस्तेमारीक आडखळ जायना. हांगा नुस्त्याचो उत्सवूच आसता. हाका केरळांत 'चाकरा' म्हणटात. नाल्ल हे ह्या जिल्ल्याचे मुखेले पीक आसा.

आदले तुळेन, आज आलप्पुषा जिल्ल्याचें म्हत्व उणें जालें आसलें, तरीय पोरण्या उडगासाच्या रुपान पषयङ्ङाडि, पुतियङ्ङाडि, मुल्लय्क्कल, गुजरातित्तेरुवु हीं वेपाराचीं मुखेल केंद्रां आसात. पोरणो दीपस्तंभ, राजमहल, वेपारी गोदामा, ह्यो फाटल्या वैभवाच्यो कुरवो आता जीर्ण अवस्थेंत आसा. ई. १९२८ वर्सा सावन आलप्पुषा बंदराचें म्हत्व उणें जायत गेलें. आज आलप्पुषा एक प्रमूख पर्यटक केंद्र आसा.

कोंकणी लोकांच्या संदर्भाती, चड करून, गौड सारस्वत ब्राह्मणाल्या इतिहासांत आलप्पुषा प्रदेश (कोंकणी जन ह्या प्रदेशाक 'अल्पळे' म्हण्टात) व्हड म्हत्वाचो. राजा केशवदासाचो पालव घेवन तांकां अल्पळेंत सूख आनी संतोश मेळ्ळो. सारस्वतांचे आगमन अल्पळेच्या वेपाराच्या विकासाक कारण जालें. शक्तन तंपुरान नांवाच्या कोच्ची राजाच्या रागापासून संरक्षण घेवपाक कोंकणी लोकांनी तांची वेंकटपतीचीं मूर्त तोरवूर आनी अल्पळे हांगा स्थापीत केली. हांगा तिरुमलदेवस्वम देवुळूय बांदलें. कोच्ची सावन देवाचे मुर्ती वांगडा आयिल्ले कोंकणी लोक

अल्पळे वेपार करूंक लागले. अल्पळेचे विकास खातीर कोंकणी लोकांचें योगदान आसा. परकाट (पुरक्काड), तोरवूर (तुरवूर), कुत्तोड (कुत्तियतोड), अरुर, कयंगोळ (कायंकुळम), हरिप्पाड, करुवाट्ट, मुट्टत्त (चेर्तला) आदी प्रदेशांत गौडसारस्वत ब्राह्मणांची वसती आसा. ताचें वांगडा कुणबीय आसात. तांचीं देवस्थानय आसात. अल्पळे गौर सारस्वत ब्राह्मणांली मुखेल देवळां दोन – पोरणे तिरुमल देवळ आनी अनन्तनारायणपूरम तिरुमल देवस्थान, हीं दोनूय भोव म्हत्वाचीं. गौड सारस्वत ब्राह्मणांनी अल्पळे एक मेडिकल कॉलेजाची स्थापनां केली. ताचें नांव तिरुमलदेवस्वम मेडिकल कॉलेज. हांगाचें टी. डी. हाइस्कूल आनी टी. डी. ट्रेनिंग स्कूल हींय कोंकणी लोकांचीच देण आसा. गौड सारस्वत ब्राह्मण म्हासभेचें दक्षिणी केन्द्र अल्पळे आशिल्लें.

अल्पळें वसती करून आशिल्ले मुखेल गौडसारस्वत ब्राह्मणांचे मदीं सात तारवांचो धनी आसलो. जनार्दन पै परकाट बंदरांत वेपार करतालो. दोराच्या हातकामाच्यो वस्ती तयार करपाक अल्पळे जिल्ल्यांत गौड सारस्वत ब्राह्मण हाणें केरळ हातकाम मंडळी नांवान एक संस्था स्थापीत केली. हीच मंडळी विदेशांत दोराक विपणी सोदून दिताली. आलप्पुषा जिल्ल्यांत गौड सारस्वत ब्राह्मण हाणें वेपाराच्या आनी वेवसायाच्या मळार कार्य केल्लें. तांचे मदीं जी. गिरिराय कामत, वी. एस. पै. मोहनदास ब्रदर्स, वी. अर्जून कामत, एम. के. नन्दकुमार कामत, आर. राजेन्द्र नायक, माधवप्रभु, सूर्यनारायण आदी मुखेल आसात. आर. के. शणै, इ. जी सुरेश, के. ए. लीलाबाय, मधुकर पै, के. पी. हेगडे, आर. पी. राव, सनत्कुमार आदी दोतोर आसात. बी. नारायण पै, बाळिगा आदी वकील आशिल्ले. आलप्पुषा जिल्ल्याच्या विकासांत हांचे योगदान भोव म्हत्वाचें जालें.

– डॉ. एल्. सुनीता बाय

हांगचे भुगोलीक आनी सैमीक रचणुकेक लागून हो वाठार पर्यटन केंद्र म्हणून मुखार आयला हांगच्यो जलसफरी, हावस – बोटी (केट्टुवाल्लम), तांदळा – जेवण (कुट्टनाद), चुंबक्कुलम स्नेक बोट – सर्त, चेट्टीकुलंगरा भरणी, नेहरू ट्रॉफी स्नेक बोट सर्त, रेवी करुणाकरन यादस्तीक वस्तुसंग्रहालय, पद्मासनी बुद्ध – पुतळो (मावेलिक्करा), केरळ राज्य लायब्ररी कावन्सील, सरदामंदिरम – आराधनामंदिर (मावेलिक्करा) ही थळा पर्यटनाचे नदरेन म्हत्त्वाची थारल्यात तेभायर हांगचीं हिंदू, मुसलमान आनी किरिस्तावांचीं धार्मीक थळां तितकीच लोकप्रिय आसतात.

१) मुल्लाकल राजेश्वरी मंदीर (ॲला प्पुझा) आनी हांगचे नवरात्र, विजयदशमी आनी थाई पुया कावडी उत्सव तशेंच बायलांचो उत्सव २) पदनिलम देवूळ (पदनिलम) आनी हांगचो शिवरात्री, कावडीयातम्, वृश्चिका महोत्सव, म्हत्त्वाचे आसात. चैट्टीकुलागरा ३) भगवती मंदीर (मावेलिक्करा) आनी हांगचो भरणी उत्सव (दक्षिणेचो कुंभमेळा), कुथियोत्तम आनी केट्टुकाझा उत्सव, कुथिरा आनी थेरू (केर, तेर, रथ) उत्सव, कुथिरा आनी थेरू हे केरळ राज्यांतले नामनेचे उत्सव आसात. ४) आर्थुनकल चर्च पूमकावूचर्च आनी एदा थुव चर्चह्यो किरिस्तांव समाजाच्यो दोन म्हत्त्वाचो इगर्जी हांगा आसात. ५) पुर्व आनी पश्चीम जुमा मशिदा, तशेंच सलाफी जुमा मशीद हीं मुसलमान समाजाचीं मुखेल प्रार्थनाथळा आसात. ६) तेभायर कांदिपूर शिवमंदिर, कोट्टान कुलागरा देवी आनी महा विष्णू देवूळ, श्रीकृष्ण स्वामी मंदिर, वर्णपल्ली मंदिर, मरारी क्कुलम महादेव मंदीर

ही हांगची म्हत्त्वाची मंदिरां आसात.

ए. आर. राजेश्वरम (मल्याळम व्याकरणकार) पी. के. नारायणन पिल्लई (साहित्यीक), के. रामकृष्णन पिल्लई (समाजसेवक), ए. के. अँथनी (राजकारण) व्ही. एस.. अच्युतानंदन (राजकारण) नवज्योती श्री करुणाकर गुरू (आध्यात्म), इट्टी अचुदन (वैजकी), वायलर रामवमी (साहित्य), मावेलिक्कर कृष्णकुट्टी नायर (वाद्य संगीत) ह्यो ह्या वाठारांतल्यो कांय नामनेच्यो व्यक्ती आसात.

– सं. मं.

आल्लयो : पळयात : साहित्य कोंकणी

आलें : (मराठी – आलें, हिंदी – अद्रक, गुजराती – आदू, कन्नड – अला, हसिसुठी, संस्कृत – आर्द्रक शृंगबेरा, इंग्लीश – जिंजर, शास्त्रीय नांव – झिंजीबर ऑलीसीनेल)

सिटेमीनी या गटातली आनी झिजिबरेसी या कुळांतली ही एक वखदी वनस्पत. हे वनस्पतिन्चे मूळ स्थान आग्नेय – आशिया, आसा म्हणयाची नोंद आसा. हें स्थान चड करून भारत वा चीन ह्या देशांनी आसपाची शक्यताय आसा.

आलें हे आठ म्हयन्याचें पीक आसून तें जमनींत वाडटा. जमनीवयर सुमार ०.५ ते १.५ मीटर ही वनस्पत वाडटा. पानां सार्दी, लांबट जिबले आकाराची. आल्याचे गड्डे हाताच्या बचक्याबशेन आसून तांची चडशीं बोटां एकमेकांक लागून आसतात.

भारत, इंडोनेशिया, वेस्ट इंडीज, जमैका, उतर आनी अस्तंत आफ्रिका ह्या उष्णकटिबंधांतल्यान वाठारांत, आल्याची लागवड मोठे प्रमाणान जाता. भारतांत, समुद्रसपाटीपासून १६०० मीटर उंचायेमेरेन, आल्याची बरी लागवड जाता. भारतांत, केरळ, आंध्र प्रदेश, गुजराथ, हिमाचल प्रदेश, महाराष्ट्र, तामिळनाडू ह्या राज्यांनी आलें रोयतात. गोयांत आल्याची व्हडलिशी लागवड ना. कांय प्रमाणान भाटांनीं लागवड केल्ली पळोवपाक मेळटा.

जाम्याची फातरापासून तयार जाल्ली जमीन आल्याच्या पिकाक बरी मानवता. काळी भुसभुशीत जमनीतूय आलें बरें जाता. आल्याचें पीक घेता ते

जमनींत उदक आडावन उरना म्हणपाची जतनाय घेवची पडटा. आल्याच्या पिकाक उष्ण आनी दमट हवामान मानवता. गोंय धरून कोंकणाचें हवामान आल्याचे लागवडीक योग्य आसा.

आल्याच्यो बरेचकडे स्थानीक जाती आसात. वायनाड ही जात केरळ राज्यांत, मारन ही आसाम राज्यांत जाल्यार माहीम ही जात महाराष्ट्र राज्यांत लायतात. ते भायर हेर कांय जाती आसात त्यो अशो :

१) सुप्रभात – ह्या जातीपासून हेक्टरी ३०–४० टन उत्पन्न मेळटा. पीक तयार जावपाक ८ म्हयने लागता.

२) सुरूची – ही जात ७ म्हयन्यांनी तयार जाता, हेक्टरी ३० टन उत्पन्न दिता.

तेभायर ॲल्पी, महिमा ह्यो जाती केरळ तशेंच महाराष्ट्रांत लायतात.

आल्याची लागवड करपाखातीर पयलीं जमीन उभी आडवी नांगरतात. उपरांत ६० सेमी अंतराचेर चरयो मारतात. कांयकडेन चरयो मारच्या बदला वाफे तयार करतात. मे म्हयन्यांत वा जून म्हयन्यांत पावसाक सुरवात जायना फुडें आल्याची लागवड करतात. लावच्यापयलीं कंद ०.३ टक्के डायथेन एम – ४५ या मिश्रणान ३० मिनटां बुडोवन लायतात.

आलें लायताना २५–३० टन हेक्टरी शेणसारें नाजाल्यार कंपोस्ट घालतात. ह्या पिकाक ७५ किलो नत्र, ५० किलो स्फूरद आनी ५० किलो पलाश एका हेक्टर सुवातिखातीर लागता. पावसाळो सोपल्याउपरांत ६–८ दिसाच्या अंतरान, पिकाक उदक दितात.

मे–जून म्हयन्यांत लागवड केल्यार आल्याचे पीक जानेवारी – फेब्रुवारी म्हयन्यांत तयार जाता. ताजे आले विकपाचे आसल्यार स म्हयन्यांनीं आलें काडटात. आल्यापासून सूंठ करपाची आसल्यार ७–८ म्हयन्यांनीं आल्याची काढणी करतात. थळावे जातिपासून १०–१५ टन उत्पन्न मेळटा, सुधारीत जातिपासून ३०–४० टन हेक्टरी उत्पन्न मेळटा.

आल्याच्या पिकाक कंद पोखरपी किडिचो मोठ्या प्रमाणान उपद्रव जाता. किडीक आळाबंद हाडपाखातीर, हेक्टरी १० किलो पोरेट हें वखद कंद लावपाच्या वेळार मातयेंत घालतात. ते भायर खोड पोखरपी कीड, खवले कीड अशा किडिंपासून आल्याच्या पिकाक उपद्रव जाता.

रोगांमदीं मुखेल रोग म्हणजे 'मोव कुज'. ह्या रोगाची लागण जाल्यार कंद मोव जाता आनी कुसता. ज्या जाग्यार उदकाचो बरो निचरो जायना अशा जाग्यार ह्या रोगाची लागण चड प्रमाणांत जाता. लावचे पयलीं ०.१ टक्के कार्बेन्डीझम ह्या वखदान कंद ३० मिनटां बुडोवन दवरतात. पानांवयले तिबे ह्या रोगाचीय पिकाक केन्नाकेन्नांय लागण जाता.

सूंठ : सुकयल्ल्या आल्याक सूंठ म्हणटात. सूंठ करपाखातीर आलें निवळ करून उदकान भिजत दवरतात, उपरांत ताचेवयली साली खरवडून काडटात. आनी ते आठ दीस सुकयतात. सुकयल्याउपरांत सूंठ तयार जाता.

बरे प्रतिची सूंठ करपाखातीर आलें उदकान घालून ताची साल काडटात. उपरांत ते परत एक दीस उदकांत भिजयतात, त्या उपरांत दाट चुन्याच्या उदकान घालतात, आनी आठ – धा दीस वतांत सुकयतात, अशेतरेन बऱ्या प्रतिची सूंठ तयार जाता.

उपेग : आलें आनी सूंठ हांचो उपेग खूप पयलिंसांवन वखदांखातीर करतात. आलें तीखट, उत्तेजक आनी वायुनाशक आसता. तकली उसळल्यार सूंठ तकलेक बांदतात. अपचन जाल्यार आल्याचो रोस पिवपाक दितात. थारावीक जेवणा – खाणांत आल्याचो एक मसाल्याचो जिन्नस म्हणून वापर जाता. जेवलेउप्रांत मुखशुद्धीखातीर, सुकयल्ल्या आल्याचे कुडके तोंडांत उडयतात. आल्याचो वापर करून शितपेयां (जिंजर) तयार करता. सूंठ आनी खडिसाखर हांचो पिठो देवाचो प्रसाद म्हण वापरपाची चाल आसा.

– विश्राम गांवकार

आवडीबाय : (जल्म : सतरावो शेंकडो) कर्नाटकांतली संतीण पदाक पाविल्ली एक कोंकणी बायल मनीस. तिणें कोंकणींत आनी मराठींत जायतें प्रसादीक काव्य केला. तिचें पुराय नांव लक्ष्मीबाय नारायणाप्पा नाडकर्णी. भुरगेपणासावंन तिची ओड देवधर्माकडेन आसली. कर्नाटकांतल्या सगळ्या तिर्थांची तिणें यात्रा केल्ली. एक वर्स गोकर्ण तिर्थाचेर शिवरात्रीच्या उत्सवा वेळार, थंयचे समुद्र वेळेर न्हाताना तिच्या कानांतलें काराफूल उदकांत शेणलें. सोदून कशेंच मेळना तें पळोवन ती काचाबूल जाली. तेन्ना थंय देवगिरीचो रमावल्लभदास नांवाचो एक संत आयिल्लो. ताच्या प्रसादान तिका तिचें काराफूल पर्थून मेळ्ळें. त्या खिणासावंन ती ताची शिश्यीण जाली. रमावल्लभदासान तिची परामर्थाकडली आवड पळोवन तिका 'आवडी' नांव दिलें.

तिका लागिल्ली भक्तीची ओड दिसान दीस वाडत रावली. मर्दी तिच्या घोवाक बेदनूटची प्रधानकी मेळ्ळून तिचेंकडेन संसारी गिरेस्तकाय आयली. तरीय ती ताचेर भाळ नासताना आपणेन आपखोशयेन घेतिल्या भक्ती मार्गान चलूंक लागली.

कर्णाटकांतल्या लोकांक कृष्णाचे भक्तीक लावंक संत रमावल्लभदासान 'श्रीकृष्ण जयन्ती व्रत' नांवाचो एक भक्ती उत्सव सुरू केलो. पयलेफावट हो उत्सव आवडीबायगेर जालो. तेन्नासांवन हें व्रत कर्नाटकांतल्या मल्लापुरा शिराळी, हेम्माडी, हट्यंगडी आनी हेर सुवातिंनी सुमार चौदा दीस वर्सान वर्स चलता. उत्तर आनी दक्षीण कर्नाटकांतल्या केळोशी – कुठ्ठाळकार बामणांच्या चडशा घराण्यांनीं हें व्रत व्हड दबाज्यान करतात. संत आवडीबायची मल्लापुरा समाधी आसून तिच्या दायजी– गोत्रांनीं थंय मठ बांदला, आनी ताका आवडीमठ म्हण वळखतात. कर्नाटकांत कोणाचीय शेणिल्ली वस्त पर्थून मेळ्ळी तर ''आवडीबायचें काराफूल तें'' अशी म्हणची थंय चाल पडल्या.

– सं. मं.

आवळी भोजन : कार्तिक शुद्ध दशमीपसून पुनवेमेरेन (चड करून शुल्कपक्षाची चतुर्दस वा पूनव) एका दिसा आवळिच्या झाडापोंदा बसून, रांदून सोयरीं–धायरीं, इश्ट–इश्टिणिवांगडा जेवण जेवतात. आवळिभोजना वेळार आवळिची पुजा करतात. हे पुजेवेळार नाल्ल दवरतात आनी आठूय दिकांनी तुपाचे दिवे लायतात आनी श्लोक म्हणटात.

धात्रि देवि नमस्तुभ्यं सर्वपापक्षयंकरि ।
नीरोगं कुरू मां नित्यं निष्पापं धात्रि सर्वदा ॥

अर्थ : धात्री (आवळी) देवी, तूं सगळ्यां पापांक क्षय करपी तुका नमस्कार. तूं म्हाका सदां सर्वकाल निरामय आनी निश्पाप कर. गोंय धरून कोंकणांत देवाचे मुर्तेक पालखेंत बसोवन आवळिच्या झाडापोंदा व्हरून थंय आवळिपूजन आनी आवळी भोजन करपाची प्रथा आसा. उपरांत थंय पुजा अर्चा करून देवांक महानैवेद्य दाखोवन जमिल्ल्यांचें जेवण जाल्या उपरांत सांजेवेळार परत पालखेची मिरवणूक देवळांत हाडटात.

केरळांत आवळी भोजनावेळार देवाक हेर फुलांच्या माळां वांगडा आवळ्याचीय माळ घालता. तशेंच देवाक आरत दाखयता ती आवळिच्या झाडाच्या दोऱ्यांची वात करून दाखयता. हांगा जेवणांतय एक खाशेलें आंवाळ्याचें खाण करता. रातिचो देवाक गरूड वहानाचेर बसोवन पर्थून आवळी झाडा पोंदा हाडटा आनी थंय आसनार बसयता.

कार्तिक म्हयन्याच्या शुल्कपक्षाचे चतुर्दसीक 'वैकूंठ चतुर्दस' म्हणटात. ह्या दिसा लोक राधेवांगडा कृष्णाची पुजा करून आवळी झाडाक १०८ प्रदक्षणां काडटा, आनी कृशणाची प्रार्थना करून समरादना घालता. आवळिभोजना निमतान देव तशे लोक रानांत म्हणजे वनांत वचून भोजन घेता म्हणून हाका 'वन भोजन' अशेंय म्हणटात.

आवाळो हें फळ विष्णुच्या चड आवडिचें. म्हणून आवळिची पुजा विष्णू देवाक पावता आनी तेवरवीं पाप नाश आनी पूण्य संचय जाता अशें मानता. म्हा प्रलयाच्या वेळार जेन्ना सगळें विश्व बुडून गेल्लें त्यावेळार देवाक ध्यान करपाक ब्रह्मदेवाच्या दोळ्यांतल्यान दोन थेंबे उदक भुंयेचेर पडलें आनी तातुंतल्यान आवळिचो जल्म जावंन फुडें सृश्टिची पुर्ननिर्मिती जाली अशी पुराण कथा आसा.

धार्मीक तसो सांस्कृतीक संदर्भ कुशीक दवरलो तरी सामाजीक एकचाराच्या संदर्भात आवळी भोजनाक खाशेलें म्हत्व प्राप्त जाता. आवळी भोजनाच्या निमतान, सगळ्या समाजांतले लोक, एकठांय येवन, एके पंगतीक जेवण घेवंन, सामाजीक समतेचें दर्शन घडयता. आधुनीक काळांत आवळी भोजनाची कार्यावळ एक धार्मीक भोगावळी पुरती उरल्या.

– श्रीमती सुशिला टी भट्ट

– सं. मं.

आवाळो : (मराठी : आवळी, हिंदी : अमलिका, गुजराती : आमला, अंबाल, कन्नड : अमलका, संस्कृत : आदिफल, अम्लिका, इंग्लिश – इंडियन गूजबेरी, लॅटिन : एंब्लिका, ऑफिझिनॅलिस, कुळ – युफोर्बिएसी)

आवाळ्याचें झाड मध्यम आकाराचें आसता. (९-१२ मी. उंच) भारतांत हीं झाडां सगळेकडेन आसतात, आनी उश्ण कटिबंधांतल्यान आनी उप-उश्ण कटिबंधांतल्या रानांनी वाडटा, ना तर ताची लागवडय करतात.

भारतांत भायर श्रीलंका, चीन आनी मलाया ह्या प्रदेशानीय हीं झाडां वाडटात. गोंय, कोंकण, अस्तंत घाट, दख्खनचे पठार आदी प्रदेशांनी सैमीक तरेन वा लागवडी केल्ले दिश्टी पडटा. आंवाळ्याच्या झाडाचे कांड साधारणशे वाकडे – तिकडे आसता, खांद्यो फाफसल्लयो, मोठ्यो, साल जाडी, पानां एका आड एक ल्हान देठाचीं आनी ल्हान आसून खांद्यो दोनी वळिंनी आसतात. फुलां पानांच्या लागसारच वा पानांसकयल्या खांदयेर मार्च-मे म्हयन्यांत येतात.

फुलांची संरचना एकलिंगी आनी सामान्य. शारिरीक लक्षणां – यूफोर्बिएसी कुलात वर्णिल्याप्रमाण, संवर्त स दलांचो, प्रपिंडे स, केसरदलांचो स्तंभ आखूड, किंजपूट तीन कप्प्यांचो, किंजले तीन, किंजल्क दोन फावटी विभागिल्ले मृदूफळ (आवाळो) गोल, दोन सेंमी, व्यासाचें आनी गुळगुळीत, फिकट हिरवट हळडुवे आनी ताचेर स उब्यो रेगो आसतात. बी एकच आनी तीन शिरी आसता.

ऑक्टोबर ते फेब्रुवारींत फळां मेळटात. फळ तूरट, थंड, मूत्रल (मूत वाडोवपी), सुकिल्लो आंवळो पातळ परसाकडे, रगत वचप, मोडशी हाचेर उपेगी पडटा.

हीं फळां कामीण, रक्तक्षय, अग्निमांद्य हाचेर दितात. आयुर्वेद वैजकी शास्त्रांत आंवाळो हिरडो आनी बेहडो अशा तीन फळाचें चूर्ण (त्रिफळाचूर्ण) तेल त्रिफळातेल) हें भरंवशाचीं वखदां आसात. तशेंच च्यवनप्राश सारक्यो शक्तिवर्धक वखदांनीय ह्यो

त्रिफळाची मूळ, साल आनी बिंयो दमो, स्वसनळयेंत जावपी भगभगप आनी पित्ता धिक्याचेर उपेगी आसता. फळांत 'क' जिवनसत्व भरपूर आसता आनी ते 'स्कव्ही' ह्या विकाराचेर गुणकारी आसता. सालींत, पानांत आनी फळांत 'टॅनीन' खूब आसता. हाचो उपेग चाडमी कमवपाखातीर जाता. आंबळो (फळ) एक उपयूक्त खाद्य आसात. ताची आंबट-तीखट रुच भोंवच मानवता.

लोणचें, वडी, मुरबा (मोरावळो) तशें खळाक घालूक ताचो वापर करता. सुकयल्लो आवळो मुखशुद्धी खातीर शेतांतली आयुधां करपाखातीर जळवपाखातीर आवाळ्याच्या लाकडाचो उपेग जाता. पालो आनी फळां गोरवां खातात.

संस्कृतीक संदर्भ : हिंदू धर्मांत आंवळ्यांक पवीत्र फळ मानतात. कार्तिक म्हयन्यांत 'तुळशिच्या लग्नांवेळार (व्हडली दिवाळी) तुळशींत ऊंस आनी चींच हांचे वांगडा आंवाळ्याची ताळी दवरतात. तुळशिचें लग्न जावचें आदीं आवाळो, चींच खांवची न्ही अशी सांगणी आसा. आयजूय गोंयांत जाण्टी मनशां तुळशिचें लग्न लागल्या उपरांतूच आंवाळो, चींच उश्टायतात.

आवाळ्याविशीं पुराणांत सांगला की, मरणाधडेर पाविल्ल्या मनशाच्या नाक, कान आनी केंस ह्या सुवातिंनी आंवाळो दवरल्यार तो मनीस विष्णुलोकांत वता. आंवाळ्याचें झाड रोवपी मनीस पुर्नजल्मापसून मूक्त जाता आनी जाच्या दारांत आंवाळ्याचें झाड आसा त्या घरांतल्या मनशाक भुतबाधा जायना.

रोटा : आवाळ्याच्यो खांद्यो, पानां आनी फळां हांचेर पिंगशे फोड येतात. ते 'रेव्हे नेलिया एंब्लिकी' ह्या चित्या खातीर जावपी 'नांबेरा' रोगापसून जातात. हो रोग आळाबंदाक हाडपाक 'बॉर्डो' मिश्रणाचो फवारो मारतात.

भूंय – आवाळो : (मराठी – भुई आवळी, हिंदी आनी गुजराती – भूमी आमली, कन्नड – किरेमेल्ली, संस्कृत – अमला वितंतिताक, लॅटिन – फायबॅथस निसरी, कूळ – युफोर्बिएसी)

एक वर्सभर उरपी वखदी झाड. उंचाय सुमार ३०-०६ सें. मी. भारत आनी श्रीलंका तशेंच ऑस्ट्रेलिया सोडू उष्णकटिबंधांतल्या हेर देशांत ही वनस्पत जाता. कोंकण आनी दक्षीण भारतांतच्या पिकांत ही

वनस्पत तणाभशेन वाडटा. हे वनस्पतीक दोन वळींत दिर्घवृत्ताकृत्ती आनी ल्हान पानां आसतात. जुलय ते ऑगस्ट म्हयन्यांत पानांचे खांचींत एकलिंगी, हळडुवीं आनी जायती फुलां येतात. पु – पुश्पां १ ते ३ आनी स्त्री – पुश्पां एकोडीं येतात. फळ सामकें ल्हान आसता.

भूंय आंवाळ्याचीं फळां कामणिचेर उपेगी पडटात. पानां भूक वाडोवपी आसतात आनी कंवळ्या पानांचो काडो आमांशा (मोडशी) चेर दितात. घायांचेर दीख उपेगी पडटा.

राज – आंवाळो : (मराठी – राजोआवळा, इंग्लीश – Star gooseberry, Country gooseberry, लॅटिन – Cicca acida, शास्त्रीय – Cicea Disticha.)

हें सादारणपणान सुमार तीन ते चार मी. उंचायेचें झाड गोंयांत तशेंच कोंकणांतल्या हेर भागांतल्या कुळागरांनी वा पोरसांनी जातात. झाडाच्या कांडाक तशेंच खांदयेच्या आंगार घोंसांनी आंवाळे लागतात. आंवाळ्याचें फळ लेव पाचवें आनी वाटकुळें आसता. पूण देंठाकडेन आनी पोंदा चेपिल्लें आसता. फळांची भायली बाजू फुगीर आनी शिरांची आसता. हें फळ वखदी आसून खावपाखातीर तशेंच लोणचें वा गोड लोणचें करपाखातीर वापरतात.

पुरक नोंद : आंवळी भोजन

– सं. मं.

आशाढ पांवळी : लग्न जाल्ले चलयेन पयले वर्सा खंय – खंय रावचे हाचे संबंदान धर्म शास्त्रान कांय नेम घाल्यात. तातूंत आशाढ पांवळेचोय एक नेम आसा. लग्ना उपरांत लग्न जाल्ली चली पयल्या आशाढांत आपल्या घोवाच्या घरा रावली जाल्यार तिची मांय म्हळ्यार घोवाची आवय मरता. (उद्वाहात् प्रथमे शुचौयदि बसेत् भुर्तुर्गृहे कन्यका हन्यात् तत्जननी). म्हणून व्हंकलेक तिच्या कुळाराक धाडटात. ह्या नदरेन व्हंकलेक एक म्हयनो म्हळ्यार सगळो आशाढ म्हयनो घोवागेर रावूक मेळना. आशाढ म्हयनो म्हळ्यार ऐन पावसाळ्याचे दीस. पावस पडत आसताना घराचे पावळे वेल्यान उदकाची सतत धार गळत आसता. हेच पद्धतीन सुनेक लागून मांय मेली जाल्यार घरच्या लोकांच्या दोळ्यांतल्यान सतत दूख्ख व्हांवत रावतलें. तशें जावचें न्हय म्हणून चलयेक आवयगेर धाडून दितात. हाचेंवेल्यान धर्म शास्त्राच्या नेमाक बगल दिवन मात्शा बऱ्या उतरांत म्हणूक लागले... नवीन व्हंकलेन मांयच्या घराची आशाढ म्हयन्यांतली पावळी पळोवची न्हय. ताचेंच रूपांतर म्हणून आशाढ म्हयन्यांतली पावळी अशें सान रूपांतलें उतर म्हणपाक लागले. तेंवूय उतर एकदम सान जावन –आशाढ पावळी ह्या रुपान वेव्हारांत आयलें.

पयलिंच्या काळांत, ल्हान पिरायेचेर आसताना चलयांचें लग्न करताले. लग्नाउप्रांतच्या पयल्याच पावसाळ्याक (आशाढ म्हयन्यांतल्या) लग्न जाल्ले ल्हान वयाचे चलयेक कुळाराक पळयल्ल्या पावसाची आनी तेन्ना केल्लो पावसांतले मौज मजेच्या यादी योवप सभावीक आसा. आनी ह्या यादिंनी ती दुख्खी जावपाचीच शक्यता आसा. अशा मौज – मजा घोवा – घरा करपाचेर मर्यादा पडपाची शक्यताय आसा. हातुंतल्यान मार्ग काडपाक म्हणून, लग्न जाल्ले चलयेक, पयल्या आशाढ म्हयन्यांत कुळाराच्या पावसाचे पांवळेचो अणभव घेवपाक आवयघरा व्हरपाची पद्दत पडली आसूं येता. घोवा घरचे लोक

अशे सोपेपणीं तिका कुळारा धाडपाक तयार जावचे नासले म्हणून, पयले आशाढ पांवळेक व्हंकल घोवा घरा उरली तर तिचो मांव वा मांय मरतली असो धार्मीक धबाडको घातला आसूं येता.

हालिंसरां, आशाढ – पांवळेचो विधी करतात. पूण, पुराय म्हयनो व्हंकल कुळारा उरना. शास्त्रापुरती तिका एक दोन दीस वा एक सप्तकभर दवरून, घोवा घरा व्हरतात.

पुरक नोंद : आशाढ फुलां

– डॉ. अनंत राम भट

सं. मं.

आशाढ (आसाडी) पुनव : आशाढ म्हयन्यांतली पुनव ही कुणबी लोकांची म्हत्वाची परब आसा. ते दिसा घरांत गोड – गोडशें करून, करमलिच्या पानार दवरून देवांक निवेद दाखयतात. ह्या दिसा घरवय पुरसाची पुजा करतात. ह्या वेळार दोन नाल्ल घरवय पुरसाकडेन दवरतात. आदल्या वर्साच्या दोन नाल्लां मदलो नाल्ल फोडून ताच्या तेलान देवाक दिवो लायता आनी दुसरो नाल्ल गांवचें शिमेर व्हरून दवरतात. ह्याच दिसा कोंब्याच्या रगतांत भिजयल्लो चरू म्हणजे भाताचें शीत गांवचे शिमेर शिंपडटात.

– सं. मं.

आशाढ – फुलां : लग्न जाल्ले चलयेक (व्हंकलेक) लग्ना उप्रांतच्या पयल्या आशाढांत, आशाढ – पांवळी घेवंक तिका घोवा घरासांवन तिच्या कुळारा व्हरतात. थंय तिणें पुराय आशाढ म्हयनो काडचो असो आदल्या तेंपार धार्मीक नेम आसलो. आतां एकदीस वा एक सप्तक इतक्या काळापुरतीच ती एक भोगावळ कशी उरल्या. आशाढ सोंपतकीर घोवा कडलीं मनशां (मांव, मांय, घोव आनी हेर) व्हंकलेच्या कुळारा येवंन तिका परत घोवा घरा व्हरता. घरांतली भायर काडचे पयलीं सुनेक आशाढ फुलां माळपाचो एक धार्मीक विधी करता. हातूंत व्हंकलेची होंट भरपाची कार्यावळ जाता. तिका घोवाकडच्या कडसून वस्त्र, खाण, भांगराची वस्त आनी फुलां बी दितात. हो विधी जातकर, घोवाकडचीं मनशां व्हंकलेक घेवन घरा वता.

पुरक नोंद : आशाढ – पांवळी

– डॉ. अनंत राम भट

आसाडी पुनव : पळयात : आशाढ पुनव.

आसन मांडी : बसपाच्या आसनांमदलें एक सादें आसन. हात–पांय–मान एके खाशेले अवस्थेंत दवरून जमनीर बसप हाका 'आसन' म्हणटात. अशा वेगवेगळ्या अवस्थेंतल्या बसपांतल्यान बसतल्याचे कुडीक एक आगळें वळण मेळटा आनी ताचेवरवीं तो करता ते क्रियेक सोपेपण मेळटा तशें तें कुडिचे भलायकेकय पुरक थारता असो अणभव आसा.

आसनमांडी म्हणजे बसतल्यान पांय दोडून, दाव्या पायांचे पावल उजवे मांडयेर, आनी जमनीर बसचें आसता. धार्मीक कार्य करताना, वा धार्मीक कार्याउप्रांत जेवताना आसनमांडी घालून बसचें असो संकेत आसा. आसन मांडी घातलेउप्रांत कूड सरळ उबी उरून, पांय दोडिल्ले अवस्थेंत कुडीवांगडा



एकठांय उरिल्ल्यान, धार्मीक विधी आनी धार्मीक जेवण घेताना दोनय क्रियांक सोपें पडटा.

हालिंच्या काळांत लोकांक खुर्चेर बसपाची संवंय जाल्ल्यान, जमनीर आसन मांडी घालून बसप आयचे पिळगेक जमना. कोणेंय तसो प्रयत्न केलो तरीय चड वेळ बसल्यार फार्टीतल्यान कळो योवपाक लागिल्ल्यान लोक आतां आसन मांडी घालून बसप पसंत करिना. तरीय धार्मीक कार्य करूंक बसतांना आजय आसनमांडी घालपाची प्रथा जायतेकडेन चालू आसा.

– सं. मं.

आसाळो (चिवारी फळ, कायल्या दोळो) : आसाळो हें एक रानफळ झाड. ह्या झाडाची झोपां दोंगुल्लेचेर तशेंच दोंगुर्ल्ले तळाच्या वाठारांनी आपशींच जाता. सादारणपणान ५ ते ६ फूट उंचायेच्या ह्या झाडाक लांबट, दाट, पांचवी आनी ५x३ इंचाची कुचकुचीत पानां जातात. खांद्यांच्या तेंगशेर चोंब्यांनी फुलां येता आनी तशींच चोंब्यांनी फळां येतात. फुलां फळां येवपाचो मोसम नोव्हेंबर ते डिसेंबर मेरेन आसता. तन्यां फुलांचो रंग पाचवो आसता तर पिकिल्लीं फळां काळ्या रंगाची आसता. फळांत भितर घट्ट काथो आनी सरभोंवतणी आंबट गोड असो रोस आसता. पिकिल्ल्या आंबट गोड फळांक एक आगळीच रूच आसता.

हीं फळां खातल्याक आपशींच हांसूंक येता असो एक समज आसा. हाचेवेल्यान ह्या फळांक हासाळे वा आसाळो हें नांव पडलां आसूं येता. कोणूय जर एकसारको हासत रावलो तर ताणें 'आसाळे खाल्या'

अशी ओंपार मारता. हांसाळे, चिवरां अशीं आनिकूय ह्या फळाक नांवां आसात.

कामीण आनी हेर येकृताचे विकार, रगत शुद्धी खातीर आसाळयाच्या पानांचो कसाय करून घेतात.

– सं. मं.

आहेर (उडगिरें, पास्सूकापड) : पळयात : केळवण

आळवांतीण : एक भूत योनी. संवसारांतल्यो इत्सा पुराय जायनाशिल्ल्यान मर्णा उपरांत ज्या जिवाक गती मेळना तो जीव भुतयोनींत वता. आळवांतीण म्हळ्यार गुरवारपणांत. बाळटेरपणांत वा भुरगें जावन रोखडीच एका म्हयन्याभितर मेल्ली बायल. तिचो जीव भुरग्याभोंवतणी घुटमळटा अशें म्हणटात. भश्टी बायल मरत तर तीं वारगत जाता अशें म्हणटात कांयकडेन तिका 'अवगत' वा देवगत, तर कांयकडेन 'म्हारगत' अशें म्हणटात. ती चड करून भश्टे बायलेकच दिश्टी पडटा अशें म्हणटात. तांबडें न्हेसण आनी तांबडी फुलां हो आळवांतिणिचो भेस मानतात. भारतीय भाशांनी हिका वेगवेगळीं नांवां आसात. कोंकणींतलें 'आळवातीण' हें उतर संस्कृतांतल्यान आयलां आसुंये. संस्कृतांत 'आल' म्हळ्यार फटोवप वा जाळें, वात म्हळ्यार वारें. भुतयोनीक वारेंसूत्र म्हणटात हें फटोवपी वा जाळ्यांत ओडून घेवपी वारें असो ताचो अर्थ जाता. भूत उतर स्त्रीलिंगी आशिल्ल्यान 'ईण' प्रत्यय लागून आळ + वात + इण = आळवांतीण हें उतर तयार जालां आसुंये.

नेपाळींत आळवांतीण ह्या उतराक 'चुरेनी' हें उतर आसा. थंयच्या लोककाणयांप्रमाण ती सोबीत बायलेचें रुप घेता आनी तरणाट्या दादल्यांक आपल्या वटेन ओडटा. ती दादल्याचेर मोग करून ताका 'भोग' लेगीत दिता. पूण भोग घेवपी दादलो कांय दिसांनी सुकून सुकून मरता. अशें मानतात. गुजरातींत हिका 'चुडेल' म्हणटात. तांच्या मताप्रमाण ही सान भुरग्यांक बादीकार करून ताचो जीव घेता. मोठ्या मनशांक ती भेश्टायता. जांचो जीव घेवपाचो आसा तांकांच ती दिसता. ती दनपरा बारा वरांचेर वा सांजेवेळार दिसता. तिचें मुखामळ दिसना, फक्त धड दिसता. ज्या म्हयन्याचे तिथीक ती मेल्ली आसता त्याच काळांत ती एक तरी बळी घेवपाचो यत्न करता. उज्याचो जाळ कशी ती अचकीत अदृश्य जाता, असो समज आसा.

आंध्र प्रदेशांत भुतयोनींतल्या ह्या प्रकाराक खासा अशें नांव ना. पूण वायुरुपान भोंवपी असंतूश्ट आत्म्यांक तेलगू भाशेंत 'दह्यम भूतम्' अशें म्हणटात. ह्या दह्यम भूतम्' विशीं बऱ्योच दंतकथा आसात. उत्तर प्रदेशांत तिका 'अहेडी' म्हणटात. ती मसंडिंतल्या झाडांनी रावता. खंयचेंय फळ पिकल्या उपरांत पयलीं हिका दिवन उपरांत मनशांनी खावंक जाय, नाजाल्यार ती त्रास दिता.

कानडी भाशेंत बाळंतपणांत मेल्ले बायलेक 'हडदसतळो' जाल्यार गुरवार आसतना मरता तिका 'इदुळूसतवो' म्हणटात. महाराष्ट्रांत मरपी बायलमनशेकय 'हडळ' म्हणटात. ही 'हडळ' मसंडींत झाडाचेर रावता. ती मनशांक बादिकार करता. केंस मानेर सोडून ती पाचवें वा हळडुवें कपडे घालता. सोबीत बायलेचें रुप घेवन ती तरणाट्यांवांगडा भोग घेता अशी वदंता आसा. हेर कडेनूय आळवांतिविशीं खूब दंतकथा आसात. गोंयांत तिची बाधा ना करचेपासत घाडी, प्रसाद हेर देवस्पणां असले उपाय करतात. गोंयांत आळवांतिणीचे बाधेचेर कुमाराची 'डाग' म्हूण एक देवस्पणाचो उपाय करतात. ह्या उपायान आळवांतिणिच्या बाधेचो पुराय बंदोबस्त जाता अशें समजतात.

– सं. मं.

आळांबो : पळयात : अळमें

आळूं (मरवाळो) : (मराठी – अळू, हिंदी – आर्वी, काचालू, संस्कृत – कच्ची, इंग्लीश – तारो, ॲरम्, एलेफंट्स इयर, लॅटिन – कोलोकेशिया ॲंटिकोरम, कूळ – ॲरॉइडी)

भारतांतल्या सगळ्या उदकाळ वाठारांत ही वनस्पत जाता. सुर्वेक ही वनस्पत आग्नेय आशियांत आसली. उपरांत ती पॅसिफीक म्हासागरांतल्या जुव्यांचेर पावली. उश्ण कटिबंध वाठारांत ही वनस्पत कंदांतल्या पिठूळ मुंडल्यांक लागून पिकयतात. धनकंदापासून सत्रेसारकीं, व्हड आनी तळाक त्रिकोनी आकाराची खांच आशिल्लीं पानां येतात. ताचो देंठ मोटो आसता तशेंच ताच्या तळाकडेन खांचशी आसता. पुष्पबंध ॲरॉइडी कुडांत वर्णन केल्याप्रमाण आसता. ताचेर ल्हान, हळडुवो, पनेळावरी तोकाचो, महाछेद येता.

कणसाच्या दांड्या पोंदा स्त्री – पुष्पां, मदीं वंध्य – पुष्पा आनी वयर पुं पुष्पा आसतात. आळवाचो देंठ आनी पानाच्यो शिरो जांभळ्यो आसल्यार त्या आळवाक 'काळें आळू' म्हणटात आनी 'देंठ आनी पानांच्यो शिरो पाचव्यो आसल्यार ताका 'धवे आळूं' म्हणटात.

आळवाच्या देंठाचो दीख लागल्यार कात कुसकुसता आनी तांबडी जाता. ताची भाजी वा तोणाक करतात. कांय आळूं खाजरी आनी न खाजरी अशे दोन प्रकार आसतात. खाजरी आळुचे भाजेंत खाज उणीं करपाक सोलां, आमटाण सारखे आमट पदार्थ घालतात.

आळवाच्या पानांपसून 'अळुवडी' करतात. आळवाच्यो मुंडल्यो (कंद) शाक – भाजेखातीर वापरतात. मुंडल्यांचो रोस जानवळिचेर (alopecia) गुणकारी आसता.

आळवाच्या फाटल्या पिकाच्यो मुंडल्यो डिसेंबरांत

काडटात आनी थंड जाग्यार सांठोवन दवरतात. कसदार आनी चिखलाचे जमनींत आळूं बरें जाता. सुर्वेक जमीन नांगरून तातूंत शेण–सारें घालून कुणग्यो करून दवरतात. उपरांत तातूंत काडून दवरिल्ल्यो मुंडल्यो रोयतात. एका हेक्टरांत वर्साक, सुमार १०,००० किलो आळवाचीं पानां मेळटात. तीन म्हयन्या उपरांत आळवाच्या पानांची कापणी करतात.

फुडें ४-४ दिसांनी कापणी करतात.

आळवाच्या पानांक 'फायटॉफ्थोरा केलोकेशी' ह्या चित्याक लागून काळशीं - तांबशीं खतां पडटात. आळवाच्या देंठाक आनी मुंडलेकूय हो रोग जाता. हाका आळाबंदा हाडपाक रेझीनयुक्त शाबू ३ : ३ : ५०० कासाच्या बोर्दो (कॉपरसल्फेट आनी चुनो) मिश्रणांत भरसून फवारो मारतात.

आळू ह्या कुळांतल्यो आनीक तीन वनस्पती आसात. कासाळीं, तेरें आनी रंगीत आळू (कॅलेडियम). व्हडल्या आकाराचीं काळशा - पाचव्या रंगांचीं दाट पानां आशिल्ली कासाळीं ही जात सोबेखातीर पोरसांत लायतात. तेचप्रमाण ही वनस्पत वखदीय आसता. चवथीक गौरी - पुजेक पत्री - फुलांचो मुठामो करता ती पत्री - फुलां कासाळेच्या पानांत गुठलावन दवरता. तेरें (कोलोकासिया) ही ल्हान आकाराची पाचव्या रंगाची पातळश्या पानांची वनस्पत. ही वनस्पत शेतां भाटांच्या देगांनीं, पावसाचे सुर्वेक आपशींच किल्लून येता. दाळ, पणसा भिकणां बी घालून तेच्या पानांची आनी कांडाची भाजी करतात. तेच्याच्या आंगांत खोरजुपाचो गूण आशिल्ल्यान, तेच्याभाज्जेक भिण्णां सोलां इल्लीं चड घालतात. आपल्या मनशाच्या अवगुणासंबंधिची वळख सांगतांनां, 'आपल्या आळवाची खोरज दुसऱ्यान सांगपाक नाकां'' अशा आशयाची कोंकणींत म्हण आसा. ह्याच वर्गांतली सुमार १५ ते ५० सें. मी. उंचायेची, ल्हान पानांची वनस्पत आसता. रंगीत तिबे आनी शिरो- उपशिरो आशिल्ली ही रंगीत आळुची वनस्पत सोबेखातीर पोरसांनी जमनीर वा कुंड्यांनी लायता.

- सं. मं.

आळवा तोंडाक : आळवाच्या देठांपासून शिजयल्लो एक मसालेदार पदार्थ.

साहित्य : २ चुड्यो आळवाचे देंठ, २ कांदे (आडवे चिरचे), १ वाटी सोय, १ कांदो (उबो चिरचो), ४ लसणी बयो, ३ लवंगां, १ मूठभर पाचवे वाटाणे चणें, सुपारेयेदी आमटाण, १ १/२ चमचो सांबार, रुची पुरतें मीठ, १ चमचो तेल.

रीत : आळवाचे देंठ सोलचे आनी बारीक कातरून उदकांत घालून दवरचें. पाचवे वाटाणे चणें रातचेच फुगत घालचे. दोन आडवे चिरिल्ले कांदे आनी १ उबो चिरिल्लो कांदो चिरून तयार दवरचो.

एका आयदनांत तेल घालून एक चमचोभर लवंगां फुलोवन काडचीं. त्याच तेलांत लसूण सोलून तळसून काडचीं. त्याच आयदनांत आनीक एक चमचो तेल घालून, उबो चिरिल्लो कांदो तळसुचो. तातूंत सोय घालून ती तांबूस जायसर भाजची. सोय, लसूण, लवंगां, आमटाण घालून वांटची आनी गुळी काडची. उदक कुशीक काडचें. उदकांत दवरिल्लें आळू झाऱ्यान काडचें. चणें आनी आळू थोडें उदक घालून कुकरांत शिजोवचें. शिजतकच आळू भायर काडून कांदो घालून शिजोवचें. सांबार, मीठ घालचें. कांदो शिजयतकच वांटल्या ती सोय घालची. धुवून आयलां तें उदक जाय जाल्यार घालचें. खतखतो येतकच दाटशेंच सकयल काडचें. हातूंत जिती सुंगटां घाल्यार हें तोंडाक चड रुचीक लागता.

हें तोंडाक जेवणावेळार खावं येताच, तेचबरोबर सकाळी वा सांजेवेळार, उंडे, पोळी, पाव वा चपातेक लावन च्या वांगडा खावं येता.

- सं. मं.

आळू – वडी (पत्र–वडे, आळुवर्ता) : रीत : आदले राती पावकिलो चण्याची दाळ आनी वाटीभर आमटाण वेगळ्या दोन आयदनांनी भिजत घालची.

आदले राती भिजयिल्ली चण्याची दाळ मोटिशीच आनी सुकिशीच वांटची. तशेंच अर्द नाल्लाची सोय वासापुरतो हींग, चमचोभर आमटाण, रुची पुरतें मीठ, गोड, जिरें, सुक्यो मिरसांगो (१५ ते २०), हळडिचो पिठो, मिरयां हें सगलें बारीक वांटचें आनी वांटिल्लें दाळींत एकठांय मिश्रण करचें. धुवून घेतिल्ल्या आळवांच्या दरएका पानांक भिजत घातिल्ली आमटाण बरी सारावची (आळू ताळ्याक खोरजुचें न्ही म्हणून). आमटावयर एकठांय केल्लें मिश्रण दर एका पानार सारावचें. एकारएक अशीं ४ पानां दवरचीं आनी ताची लोळी करची. अशोच लोळ्यो उरिल्ल्या पानांच्यो करच्यो. एका तोपांत उदक सळसळावचें. त्या उदकावयर एक चाळण दवरून ह्यो लोळयो ते चाळणीर दवरच्यो आनी चाळणीवयर गच्च धापणे दवरून ह्यो लोळयो बऱ्यो उकडच्यो. वराभरान तोप उज्यावेलो सकयल काडून ह्यो लोळयो न्हिवोवच्यो. सुरयेन ह्यो लोळयो वाटकुळ्यो कापून ताच्यो वडयो (कापी) करच्यो. ह्यो आळुवड्यो फ्रिजांत दवरून, जाय जाय तेन्ना भायर काडून तव्यार तेल घालून तळूंक मेळटा.

– सं. मं.

आळुवर्ता : पळयात : आळू वडी

इंग्रजी साहित्य (कोंकणी मनशांनी बरयल्लें) : पळयात : साहित्य

इंडियन इन्स्टिटयूट ऑफ टेक्नोलॉजी मुंबई (आय. आय. टी.) : अभियांत्रिकी आनी तंत्रगिन्यानाचें खाशेले तशें उंचेल्या पांवड्याचें शिक्षण आनी संशोधन ह्या मळांचेर वावर करपी भारतांतली नावाजती संस्था. मुंबय शारापासून अठरा मैलांचेर आशिल्ल्या पवई ह्या वाठारांत सुमार ५५० एकर जमनीचेर हे संस्थेचो कारभार चलता. अशे तरेची ही भारतांतली सगळ्यांत पोरणी अशी दुसरी संस्था आसून, महाराष्ट्रांतली सगळ्यांत व्हडली संस्था आसा. युनेस्को येवजणिखाला सोविएट युनीयन सरकारान हे संस्थेखातीर साधन सामुग्री आनी तंत्रज्ञ दिवपाची मान्यताय दिली आनी भारत सरकारान इमारती बांदावळ धरून हेर सगळो खर्च सोसपाची तयारी दाखयल्या उप्रांत, तेन्नाचे पंतप्रधान श्री. जवाहरलाल नेहरू हाणें हे संस्थेचे बुनयादिचो फातर १० मार्च १९५९ दिसा बसयलो. अशेच तरेच्यो आनीक स संस्था देशाच्या विविध राज्यांनी वावर करतात आनी तांची स्थापना लोकसभेंत पास जाल्ल्या अधिवेशनावरवीं जाल्या. मुंबयची संस्था धरून सगळ्याच अशा संस्थांनी विज्ञान, अभियांत्रिकी आनी तंत्रगिन्यानाच्या मळार संशोधन चलता आनी तंत्रगिन्यानांत कुशल मनीसबळ तयार करपाचो मोलादीक वावर हांगा चलता. हांगच्या संशोधन वावराक संसारभर मान्यताय प्राप्त जाल्या. मुंबयचे संस्थेन संसारान मान्यताय दिल्ले वेगवेगळ्या विशयांतले जाणकार तयार केल्यात आनी तांणी भारतांत तशे भारताभायर विज्ञान आनी तंत्रगिन्याना मळार देशाचे उदरगतीचे प्रकल्प यशस्वीपणान पुराय केल्यात. भारताच्या विद्या – प्रकल्पांत वयली सुवात जोडिल्ले हे संस्थेंत पदवीपूर्व, पदव्युत्तर आनी संशोधनाखातीर देशांतल्या तशें देशाभायल्या हुशार



विद्यार्थ्यांची एकत्रीत प्रवेश परिक्षेवरवीं निवड करतात. दर वर्सा सुमार ५०० पदवीपूर्व, १०० पदव्युत्तर आनी ५५० वेगवेगळ्या पदव्युत्तर प्रकल्पांचेर काम करपी विद्यार्थी शिक्षण घेतात. खगोल अभियांत्रिकी, रसायनीक अभियांत्रिकी रसायनशास्त्र, गणित, भौतीक शास्त्र, विद्युत अभियांत्रिकी, उर्जा-विज्ञान, यांत्रिकी अभियांत्रिकी, धातू अभियांत्रिकी आनी हेर विशयांचेर हांगा शिक्षण दितात. संस्थेच्या आहापाक फावशो प्रयोग झाला, वाचपघरां आनी हेर सुविधा हांगां उपलब्ध आसात. हे संस्थेंत प्रवेश मेळप आनी हे संस्थेंतल्यान पदवी मेळप ही देशभरच्या विद्यार्थ्यांखातीर अभिमानाची गजाल जाल्या.

– श्री. जे. बी. मोरायस

इंडियन महासागर : पळयात : हिंदी म्हासागर.

इंतेर : किरिस्तांव समाजाची मर्णक्रिया : 'इंतेर' हे उत्तर 'इंतेरु' (Emterro) ह्या पुर्तुगीज उतरा वयल्यान आयला. पुर्तुगीज भाशेंत 'इंतेरु' म्हटल्यार दफनविधी. किरिस्तांव समाजांत मेल्ल्या मनशाचे कुडिचें दफन करतात आनी ताचें वयल्यान 'इंतेर' हें उतर घोळणकेंत आयलां आसूं येता. पुर्तुगीज भारतांत आयलें उप्रांत आनी इंक्विझिशनाच्या काळांत, बाटा-बाटिंतल्यान गोंयच्या हिंदुंचें धर्मांतर जाल्याउप्रांत, मर्णक्रियेक 'इंतेर' म्हणपाक लागले, आसूं येता. सगळ्याच धर्मांमदीं मर्णक्रियेसंबंधी कांय समान उपचार दिसतात. मेल्ल्या मनशाची कूड सरळपणान दवरप, तिका न्हाण घालून वस्त्र न्हेसोवन, फुलां ओंपप, गंध - कुंकूम सारके शिरंगार करप, तिच्या तोंडांत तिर्थामृत वा साखरेसारको पदार्थ दवरप, धर्म गुरूकडसून मेल्ल्या मनशाच्या आत्म्याखातीर शांती मागप, घरच्या आनी लागिंच्या मनशांनी खांद दिवन कूड घराकडसून मसुंडेंत (सिमितेर, कब्रस्तान) व्हरप

आनी घरच्यांकडसून पयलीं मातयेक लावप वा अग्नी दिवप आनी उप्रांत बऱ्या मागप्यांनी माती वा लाकूड दिवप. ह्यो सगळ्याच धर्मांतलेल्या सर्वसादारण क्रिया आसल्यो तरी दर एका धर्मांत कांय वेगळ्यो क्रिया करतात. किरिस्तांव धर्मांत मेल्ल्या मनशाची कूड काशावांत (शवपेटी) न्हिदयता, आनी तिच्या दोनय हातांत ल्हानसो खुरीस दिवन हात छातयेर दवरता. हिंदूमदीं प्रेत निसणीर (तिरडी) दवरता. मुसलमान लोक तिरडिचेर दवरता. पूण तिचेर कपड्याचे पाखें कशें करतात ताका 'जनाजा' म्हणटात. हिंदुमदीं आत्म्याक शांती दिवपाचे धार्मीक विधी घरांत आनी मसुंडेंत करतात. मुसलमानांमदीं धार्मीक विधी मशिदेच्या दारांत करतात. ख्रिश्चन धर्मांत हे विधी घर आनी मसुंडे वांगडाच इगर्जेंतय करता आनी ते खातीर कूड इगर्जेंत आल्तारा मुखार दवरता. दफन विधी वेळार घरचीं आनी लागचीं मनशां दुखवट्याचे काळें वस्त्र न्हेसतात.

पूरक नोंद : किरिस्तांव समाज

– सं. मं.

इंदूर : पळयात : उंदीर.

इगर्ज (चर्च) : देवाची प्रार्थना करूंक जंय किरिस्तांव समाज एकठांय येता त्या प्रार्थना थळाक 'इगर्ज' अशें म्हणटात. 'इगर्ज' हें कोंकणी उतर पोर्तुगेज 'इग्रेज' ह्या उतरावेल्यान आयलां आनी पोर्तुगेज 'इग्रेज' आनी इंग्लीश उतर 'चर्च' हीं ग्रीक 'एक्लेजिया' आनी 'कहाल' हातुंतल्यान आयल्यांत. ताचो अर्थ एकठांय आपयिल्ली जमात असो जाता.

क्रिस्ती शकाच्या पयल्या तीन शतमनांनी किरिस्तांव लोक धर्मीक आनी राजकी पिडा-पिडीक लागून उकत्या सुवातिंनी व्हड घरांनी. काताकूंब (catacomb) म्हूण नांवाजिल्ल्या भुयारी सिमितेरिंनी एकठांय येताले. रोम शारांत किरिस्तांवांची पिडापीड सोंपतकच ३२६ वर्सां कोन्स्तांतीन राजान किरिस्तांव धर्माक राजधर्माची मान्यताय दिली. तेन्नासावन इगर्जी बांदप सुरू जालें. हीं बांदपां युरोपांतल्या घरशिल्पाचो मुखेल नमुनो जावंक पावलीं. पयली व्हडल्यो इगर्जी बाजिलिकाचो रोमन सरकारी इमारतीचो नमुनो वापरून बांदल्यो. हांका लागून क्रिस्ती म्हामंदिराक

'बाजिलिका' म्हणटात.

एक लांब साल आनी सालाचे एके कुशीक मिसाची वेदी (आल्तार) आसता.

बायझंटायन (Byzantine) शैलीचीं बांदपां ४ थ्या ते ६ व्या शतमानांत आशियांत चलणुकेंत आयली. ५३२ वर्सा, इस्तांबूल शारांत व्हड घुमटा आकाराची आनी चारूय कोनशांक उंच मिनार आशिल्लीं, हागिया सोफिया इगर्ज बांदली. असल्या इमारतींनी मोझाइक (Mosaic) नांवाचीं रंगारंगांच्या फातरांक पट्यांनी सजयिल्लीं चित्रां आसतालीं. बायझंटायन शैली ग्रीक, रशिया आनी कांय इटायिलन गांवांनी पातळ्ळी.

८ व्या आनी ९ व्या शतमानांत कारोलिंजियन (Carolyngian) पद्धतीन इगर्जी बांदताले. व्हड आनी दाट वण्टी, ल्हान जनेलां, वाटकुळें आर्क, मोटे आनी मोटवे खांबे ह्या इमारतींनी वापरताले. इगर्ज खुरसाच्या आकाराची आसताली. आनी बल्कावांक तेंकून ल्हान ल्हान कपेलां बांदताले.

घुमट आनी तेंको दिवंक वण्टी बांदपाची पद्धत सुरू जाली. हांगाच्यान गॉथिक (Gothic) पद्धत आयली. नवे पद्धतीचे नाजूक घुमट, पातळ वण्टी, तोंकाचे आर्क (Pointed Arch) तेंको दिवपी मोटे वण्टीचेर (flying buttresses) ल्हान मिनार, फातरांनी कोरांतून केल्लो मुखभाग (facade) आनी व्हड घांट हुमकळावंक मोटें गोपूर - हीं गॉथिक बांदावळिचीं लक्षणां. ताका व्हड जनेलांचीं रंगीत आरशांची (Stained glass) चित्रां लायताले. आमियां (Amiens), नोत्र दाम द पारीस (Notre Dama de paris) असले काथेद्राल (cathedral), कॅन्टर्बरी (Canterbury) आसलें तिर्थक्षेत्र, ला ग्रांद शार्त्रूज (La Grande chartreuse) सारके मठ, गॉथिक पद्धतीच्यो इमारती म्हूण संवसारभर नामनेक पावल्यात.



इगर्ज (मंगळूर)

१५ व्या आनी १६ व्या शतमानांत रेनसांस (Renaissance) पद्धत आयली. ग्रीक आनी रोमन काळाचे प्रकार नव्यान वापरूंक लागले. रोमांतली म्हालगडी सांत पेद्रूची बाजिलिका, लंडनांतली सेंट पॉल्स कॅथेड्राल, व्हडल्या गोंयची सी कॅथेडाल आनी नोसा सिवोरा द दिवीन प्रॉविदेंसिया (St. cajetan's) ह्यो रेनेसांस बांदावळीच्यो इगर्जी आसात.

१७ आनी १८ व्या शेतमानांत बारोक (Baroque) प्रकार उजवाड - सावळेचो फरक दाखयता. रोमांतली जजू (Gese), गोंयची बाँ जेजू इगर्ज ही हे पद्धतीचीं देखी आसात. केरळांतले बारोक इगर्जांचे बांदावळींत युरोपी पद्धतीचेरय प्रभाव घाल्लो दिसता. भारतीय बारोक प्रकारच्या इमारतींमदीं व्हडल्या गोंयची आनी मडगांवची इश्पिरितु सांतु, तळावलेची सांताना, दिवाडेची पियेदाद, जुंवेची सांतइश्तेवांव ह्यो इगर्जी नावाजिल्ल्यो आसात. व्हडल्या गोंयच्या रेनेसांस आनी बारोक इगर्जांक लागून ह्या वाठाराक 'उदेंतेचे रोम' अशें नांव पडलां.

१९ व्या आनीं २० व्या शतमानांत तिखे, कॉंक्रिट आदी वापरून आदल्या आनी नवे मोदीच्यो इमारती बांदल्यो. हालींच्यो इगर्जी चडशो आर्विल्ल्या मोदीच्यो आसतात. देखीक, मडगांवची ग्रेस चर्च, कार्मेलीन मठ आनी पणजेची डॉन बॉस्को इगर्ज. ह्या इगर्जांनी कॉंक्रीट वापरून व्हड सालां बांदल्यान आनी हारशाची व्हड जनेलां आसात. वांटकुळ्या वा

बहुकोनी आकाराच्या इमारतींनी वेदी मजगतीं जायतो लोक चोंयवशीनी रावपाची वेवस्था आसता. भारतीय पद्धतीन बांदिल्ल्यो कांय इगर्जी आसात. बेळगांव लागसार देशनूर गांवांत लिंगायत देवळाचो नमुनो घेवन बांदिल्ली इगर्ज आसा.

गांवांतल्या वाड्याचेर प्रार्थनास्थळ म्हणून ल्हान आकाराची इगर्जेची प्रतिक्रिती बांदतात. हाका कपेल म्हणटात.

इगर्जेंतल्या मुखेल मंडपांत मुखेल दारा फुडले वण्टीर आल्तार (वेदी) आसता. हे वेदीर लाकडी कोरीव काम केल्ल्या देव्हाऱ्यांत मदीं मुखेल प्रार्थना संताची संतिणीची मूर्त आनी दोनय कुशींक दोन पालवी संत संतणिची मूर्त आसता. वेदीच्या तळाकडेन सादारण उंचायेचेर धार्मीक उपदेश (शेर्मांव) करपाक फादराक उबो रावपाची वेवस्था आसता. सकयल सभाघरांत भक्तांक बसपाखातीर बाकांची वेवस्था आसता. ह्या सभाघराचे एके कुशीक कन्फेशन बॉक्स (कबुली–पेटी) आसता. इगर्जेच्या घुमटाचेर घांट बांदिल्ली आसता. इगर्जेचें प्रशासन तशें वेवस्थापन त्या त्या थळांतल्या वांगड्यांकडच्यान जाता.

– सं. मं.

इडली : पळयात : सान्नां.

इन्रूज : पळयात : कार्निवाल

इन्क्विझिशन : किरिस्तांव धर्मांतलें धर्मीक न्यायमंडळ वा धर्मसमीक्षक सभा. तेराव्या शतमानांत युरोप खंडांत, लोकांच्या धर्मचाराचें निरिक्षण करपाखातीर एक मंडळ घडयल्लें. हें मंडळ जर एकाद्रो मनीस कॅथलिक धर्म – नितीक पाळो दिना अशें दिसलें तर ताका ख्यास्त फर्मायतालें आनी ती ख्यास्त चलणुकेंत हाडटालें. हे कार्य करपी मंडळ वा सभा म्हळ्यार 'इन्किझिशन.' धर्मीक समीक्षण सभेची व्याख्या विंगडविंगड लेखक विंगडविंगड तरेन करतात. कांय जाण आदाम ईव्हाच्या काळांत वचून देवाक धर्मसभेचो पयलो जाळवणदार मानतात. सिसिली देशाचो पारामो आपल्या 'द ओरिजीन अेट्र प्रोग्रेस्यू इन्किझिशन' ह्या पुस्तकांत म्हणटा – 'देव धर्मीक सभेचो पयलो जाळवणदार आसून ताणें आदाम आनी ईव्हाक धर्मीक न्यायालयांत फर्मायिल्ली ख्यास्त न्यायालयीन प्रक्रियेंची पयली घडण (model) आसली. आदामाक दिल्ली ख्यास्त 'धर्मीक' आसली.

धर्मसमीक्षण सभेचें कर्तूप युरोप आनी क्रिस्ती धर्माच्या इतिहासांतलो एक भिरांकूळ काळखंड जावन आसा. प्रा. अ. का. प्रियोळकार आपल्या 'इन्किझिशन' ह्या ग्रंथांत फुडले तरेन म्हायती दिता.

''क्रिस्ताच्या मरणाउपरांत ताचे कांय अनुयायी युरोपांत पळून गेले. तांच्यावांगडा किरिस्तांव धर्म थंय पावलो. यहुदी प्रदेशांतले भशेन हांगाय तांचो खर छळ सुरू जालो. सुमार २५० वर्सां असो छळ आनी कश्ट सोसतकच तांकां बरे दीस आयले. रोमाच्या कोंस्तांतीन राजाची चली क्रिस्ती अनुयायांच्या वखदान बरी जाली. ताका लागून ताणें किरिस्तांव धर्म आपणायलो. वयले घडणुकेक लागून किरिस्तांव धर्माक राजाश्रम मेळ्ळो, जे वरवीं हो धर्म युरोपभर पातळपाक लागलो. ह्या धर्माक किरिस्तांव धर्म म्हणपाचें सोडून 'रेलिजिआंव कोतोलिक

आपास्तोलिक रोमान' हें नांव मेळ्ळें. राजसत्तेची शक्त मेळिल्ले क्रिस्त धर्माचे अनुयायी हेर धर्मियांचो खर छळ करपाक लागले, तशेंच हेर धर्मियांक किरिस्तांव धर्माची दिक्षा दिवपाक लागले. पूण नव्या धर्माची दिक्षा घेतिल्ले नवक्रिस्ती लोक आपली पयलींची परंपरा फुडें चलोवपाक लागले. तेन्ना ह्या लोकांक ख्यास्त भोगोवपाक 'इन्किझिशन' ह्या धर्मीक मंडळाची थापणूक, १२२९ वर्सा क्रिस्ती धर्मगुरू पोप ९ वो ग्रेगरी हाणें केली. उपरांत ताणें बिशप आनी आर्चबिशप हांची एक परिशद आपयली आनी तातूंत थाराव संमत केले. हे थाराव म्हळ्यार धर्मीक मंडळाचे नेम.'

धर्मीक मंडळाचे नेम मानिनाशिल्ल्या नास्तीक लोकांक, चेटूक, जादू करपी दादलेबायलांक जिवीं जाळपाची वा गोळाक लावपाची ख्यास्त हे धर्मीक न्यायलय दितालें. फुडें इटली, फ्रांस, जर्मनी आनी स्पेन ह्या कॅथोलीक देशांतय हे संस्थेचो शेंक सुरू जालो. ह्या देशांतल्या थळाव्या ज्यू लोकांक सक्तीन किरिस्तांव धर्माची दिक्षा दिली. पूण ते जेन्ना किरिस्तांव धर्माचे नेम पाळिनात अशें दिसून आयलें, तेन्ना इन्किझिशनचे अधिकारी तांकां गोळाक लावपाक लागले. हे भिरांकूळ ख्यास्तीक भिवन जायते ज्यू, पोर्तुगालाक धांवले. पूण थंय लेगीत तांकां किरिस्तांव धर्माचे नेम पाळपाखातीर इन्किझिशनान सक्ती केली. ह्या सगळ्या धर्मीक अत्याचारांक लागून लाखांनी ज्यू लोक सोंपले. फ्रांस देशांतली नामनेची झुजारी बायल 'जॉन ऑफ आर्क' हिका चेटूक आनी जादू करपाचो आरोप दवरून धर्मसमीक्षण सभेन जिवी जाळपाची ख्यास्त फर्मायली. धर्मसमीक्षण सभा अशे तरेन आपल्या हिताआड येवपी मनशाक सोंपयताली आनी आपलें व्हडपण गाजयताली.

पोर्तुगाल आनी इन्किझिशन : सन १५२१ त दाँ मानुयेलाक मरण आयल्या उपरांत, तिसरो

छळचाक

दाँ ज्युआंव पोर्तुगालचो राजा जालो. हो राजा खर धर्मनिश्ठ आसलो. पोर्तुगालची जनता थळाव्या ज्यू लोकांचो दोन कारणांक लागून छळ करताली. पयलें, क्रिस्ताक मारिल्ल्या काळासावन, किरिस्तांव लोकांक ज्यू विशीं द्वेश आसलो. दुसरें, ज्यू वेपार

– धंदो करून गिरेस्त जाल्ले. ज्यू लोकांची गिरेस्तकाय राजा जाणा आसलो. अशा वेळार धर्म समीक्षण सभा (Inquisition - इन्क्विझिशन) पोर्तुगालांत स्थापपाविशीं हितसंबंधियांनी राजाचेर चेपण हाडलें. मूळ स्पेनची राजकुंवरी आनी पोर्तुगालची राणी दॉना कातारीन हिणेंय धर्म समीक्षण सभा स्थापनेविशीं आगरो धरलो. तिकाय ज्यू लोकांची तिडक आसली. ह्या विंगडविंगड कारणांक लागून राजान, पोप सातवो क्लेमेंत हाचेकडेन धर्मसमीक्षण सभा नेमपाविशीं बुद्ध घेतली. १७ डिसेंबर १५३१ ह्या दिसा पोपान पोर्तुगालांत धर्मसमीक्षण सभा नेमिल्ल्याचें जाहीर केलें. हे धर्मसमीक्षण सभेन उपरांत ज्यू लोकांचेर जबर अत्याचार केले. ज्यू लोकांनी क्रिस्त धर्म आपणायल्या उपरांत लेगीत तांचेर मानसीक आनी शारिरीक अत्याचार जाले. तांची संपत्ती सरकारान ताब्यांत घेतली. अशेतरेन पोर्तुगालचे ज्यू देशोधडीक लागले. धर्मसमीक्षण सभेचीं दुश्टपणां तेंगशेर पावलीं, तेन्ना पोप सातवो क्लेमेंत हाका आपली चूक समजली. १७ ऑक्टोंबर १५३२ दिसा एक फर्मान काडून ताणें धर्मसमीक्षण सभा (इन्किजिशन) रद्द केली. ७ एप्रील १५३३ दिसा एक फर्मान काडून ताणें सगळ्या ज्यू लोकांक रासवळपणान माफ केले, तशेंच नव क्रिस्तींचो छळ करपाचेर बंदी हाडली. कांय दिसा उपरांत पोप क्लेमेंती भायर पडलो आनी तिसरों पॉल पोपाचे गादयेर आयलो. ताणें राजा तिसरो दाँ ज्युआंव हाच्या आगऱ्यावेल्यान २३ मे १५३६ ह्या दिसा धर्मसमीक्षण सभेची पुनर्थापणूक केली. हे सभेन नवक्रिस्ती आनी ज्यू लोकांचेर भिरांकूळ अत्याचार केले.

गोंय आनी इन्क्विझिशन : सन १५१० त, पोर्तुगेजांनी गोंयांत प्रवेश केलो. त्यावेळार तीस गांव आशिल्लो तिसवाडी तांच्या ताब्यांत आयलो. सन १५४२ मेरेन साश्ट आनी बारदेस म्हाल तांणी आपल्या शेकातळा हाडले. तिसवाडी म्हालांत सक्तिचें क्रिस्तीकरण करपाक १५४० त सुरवात जाली. फुडें नव क्रिस्तांक धर्माचें शिकप दिवपाच्या निमतान सेंट फ्रांसिस शाव्हियर गोंयांत आयलो. किरिस्तांव धर्माचो प्रसार गोंयांत करप सोपें जावंचें हेखातीर 'धर्मसमीक्षण सभा' गोंयांत आसची अशें ताका दिसलें. १६ मे १५४६ ह्या दिसा ताणें पोर्तुगालचो राजा दाँ. ज्युआंव (तिसरो) हाका तेसंबंदी पत्र बरयलें. सेंट शाव्हियर हाची मागणी राजान आयकून घेतली ना. पूण ताच्या मरणाउपरांत पोर्तुगालांत गोंयांतय धर्मसमीक्षण सभा (इन्क्विझिशन) जावची अशें मत तयार जालें. कालांतरान १५६० वर्सा, गोंयांत धर्मसमीक्षण सभेची थापणूक जाली. आलेक्स दियश फाल्कांव हो धर्मसमीक्षण सभेचो मुखेल जाळवणदार म्हूण गोंयांत आयलो.

एक फावट किरिस्तांव धर्म आपणायिल्ल्या लोकांनी आपलो धर्म सोडून आपल्या मूळ धर्मांत वचचें न्हय, हो धर्मसमीक्षण सभा गोंयांत स्थापपा फाटलो मुखेल हेत आसलो. ते भायर ही सभा किरिस्तांव धर्माचो कायद्याच्या रुपांत बळयां प्रसार करप ह्या ध्येयान चलताली. इन्क्विझिशनाची सत्ता गोंय जुंवो (तिसवाडी), बारदेस, साश्ट ह्या म्हालांचेर चलली. तांकां 'पोरन्यो काबिजादी' म्हणटात. गोंयचे हेर म्हाल पोर्तुगेजांच्या हातांत दोनशीं वर्सां उपरांत आयले. ताका लागून थंयच्या लोकांक इन्क्विझिशनाचो त्रास जालो ना. इन्क्विझिशनाची सत्ता पोर्तुगेज सरकाराचे. सत्तेपरस बळिश्ट आसली. ज्या मनशाचेर दुबाव घेवं येता ताची चवकशी करचेपासत आर्चबिशप आनी इन्क्विझिशन मुखेली

पकड वॉरंट काडपाक शकताले. ताची संपत्ती जप्त करून ती कोणाकडेनय राखपाक दवरताले. जर दुबावीत मनशाआड गुन्यांव सिद्ध जालो तर ती संपत्ती नगरपालिकेक दिताले.

इन्किझिशनान नवकिरिस्तावांचो लग्नसुवाळो, साकरपुडो आनी हेर धर्मीक सुवाळ्यांखातीर कडक नेम तयार केल्ले. गोंयांत रावपी हिंदू–मुसलमानांकय उपरांत ते नेम लागू जाले. सन १६१३ त व्हिसरेय दाँ जेरॉनिमू द आझेव्हेद हाणें एक हुकूम काडून हिंदूंक धर्मसमीक्षण सभेन दिसाचीं ज्या वेळार लग्नां करची न्हय अशें सागलां, त्या दिसा गांवाभायर वचून लेगीत लग्नां लावंचीं न्हय अशें सांगलें. हो हुकूम मोडटल्याक १००० आश्रफींचो दंड करताले. गोंयची हिंदू संस्कृताय नश्ट जावंची आनी किरिस्तांव धर्माचो चडांत चड प्रसार लोकांमदीं जावंचो हो हे नेम करपा फाटलो हेत आसलो. वयल्या नेमांच्या भयान हिंदू तशेंच नवक्रिस्ती लोक आपली घरांदारां सोडून मद्रास, म्हैसूर, कोचीन, मंगळूर, घांट माथ्यार आनी हेर वाठारांत गेले. सद्याक जे कोंकणी लोक कर्नाटक वा केरळ आनी महाराश्ट्र प्रदेशांत स्थायीक जाल्ले आसात, तातुंतले कांयजाण इन्किझिशनच्या काळांत गोंयाभायर गेल्ल्या लोकांचे वंशज आसात. इ. स. १७७० त मार्केश द पाँबाल हो उदारमतवादी मनीस पोर्तुगालचो प्रधानमंत्री जालो. ताणें इन्किझिशनाची वायट कर्तुपां पळोवन १७७४ त ताचेर बंदी घाली, तशेंच थंयच्या सगळ्या पंथांच्या मिशनऱ्यांक धांवडावन घाले. ह्या मिशनऱ्यांची संपत्ती सरकारान ताब्यांत घेतली. पाँबालच्या मरणा उपरांत दाँ. मारिया ही पोर्तुगालची राणी जाली. सन १७७९ त तिणें 'इन्किझिशन' परतें सुरू केलें. पूण तातूंत आदलो नेट नासलो. सन १८१२ त मात 'इन्किझिशन' सासणाचे बंद केलें.

इन्किझिशनाची बंदखण आरोपीचो छळ करपाचें तशेंच मानसीक आनी शारिरीक त्रास दिवपाचें केंद्र आसलें. हो छळ करपाक खासा उपकरणां तयार केल्लीं. हे बंदखणींत दादल्या–बायलांक नागडीं करून तांच्या कुडींचेर अत्याचार करताले. गोळाक लावन उदक पिवपाचो मांरो करप, हुलपोवप, हात–पांय कातरप अशे कांय अत्याचार आसले. ताका लागून ते निश्पाप आसले, ते लेगीत गुन्यांव कबूल करपाक लागले. उपरांत अशा गुन्यांवाचें वर्णन करपाखातीर धर्मीक न्यायालय चेंपण हाडटालें, पूण तो वा ती गुन्यांवाचें वर्णन करूंक शकनासलें. तेन्ना तांचो आनीकूय छळ जातालो. डॉ. देलॉ ह्या फ्रेंच भोंवडेकारान ह्या छळाचीं वर्णनां सविस्तरपणान बरोवन दवरल्यांत. तो गोंयच्या इन्किझिशनाचे बंदखणींत आसलो. ताचे पुस्तक फ्रेंच भाशेंतल्यान १६८४ वर्सा उजवाडाक आयलें. तातूंत पोर्तुगेजांच्या गोंयांतल्या इन्किझिशनाची माहिती मेळटा. सन १८१२ त ताची पांचवी आवृत्ती उजवाडाक आयली. ह्या दोगांकय लागून संवसाराक 'इन्किझिशना' विशींचें कार्य कळ्ळें.

गोंयचें इन्किझिशन हें गोंयांतल्या कॅथलिक किरिस्तांव संस्कृतायेचें त्या काळांतलें विकृत रूप आसलें. तातूंत किरिस्तांव धर्माचें मनीसपण, शुद्धपण, मानवतावादी नदर नासली, तर क्रूरपण, खुनशीपण आनी विकृत मनोवृत्ती आसली. पाद्री साल्दान्य हाणें इन्किझिशनाक भयांकृत कोर्ट (Terriuel Tribunal) अशे म्हळां. इन्किझिशनांच्या हुकुमनाम्यांत गुन्यांवकारांक दिवपाक येवपी ख्यास्तीविशीं सांगलां. तातुंतल्यो कांय ख्यास्ती फुडले तरेन आसात : सरकारी गलबताचेर वर्सांची

वर्सां कैदी जावन कश्ट करप, आफ्रिकेसारक्या जाग्यार बंदखण भोगप, जिवो लासप, जिवो लासपाची ख्यास्त जाल्ल्या गुन्यांवकारान किरिस्तांव धर्मांत मरपाची इत्सा परगटायल्यार ताचो गळो दामून जीव घेवप. बंदखणींत गुन्यांवाचो निकाल लागचें आदीं जर एकाद्र्याक मरण आयलें, तर कसलोच धर्मीक विधी करिनासतना ताची कूड बंदखणीच्या वाठारांत पुरताले. खटल्याचो निकाल लागून जर गुन्यांव सिद्ध जालो जाल्यार गुन्यांवकाराचीं पुरिल्लीं हाडां उस्तून काडून तीं लासताले.

लिस्बन शारांतले नॅशनल लायब्ररींत, जुआंव देल्लगादू फिगैर हाणें बरयिल्लें (Reporterio Geral) नांवाचें हातबरप आसा. ह्या हातबरपांत सन १५६५ सावन १६१५ मेरेन गोंयांत इन्क्विझिशनान चलयिल्ल्या ३८०० खटल्यांची नोंद आसा. गोंयांतलें इन्क्विझिशन अशे तरेन सुमार अडेचशीं वर्सां चललें. ओल्ड गोवा हांगा बों जीझस इगर्जीफाटल्यात करमळी – दोंगरी गांवांत जो रस्तो वता, त्या रस्त्याचे कुशीक एक खांबो (Pelourinho Novo - पिलोरिन्य नोवो) उबो आसा ताका 'हात कापोखांब' (हात कापपाचो खांबो) म्हणटात. इन्क्विझिशनाच्या काळांत गुन्यांवकारांचे हात कापपाची ख्यास्त ह्या खांब्यार दिताले.

बळजबरीन किरिस्तांव धर्मांत हाडून बाटयल्ल्या लोकांनी किरिस्तांव धर्म सोडून वचचें न्ही आनी जे कोण सहजतायेन किरिस्तांव धर्म स्विकारिना तांचेर भंयाचें दडपण हाडून तांकां धर्मांतर करपाक प्रवृत्त करचें ह्या उद्देशान लागू केल्लो हो धर्म – छळ आसलो तरी त्या काळांत जीं धर्मांतरां जालीं तीं सगळींच बळजबरीन जालीं ना. कांय धर्मांतरां धर्मांतरावरवीं जावपी फायद्यां – सोयीं खातीरय जालीं अशें कांय इतिहासकारांचें मत आसा. धर्मांतर करपाक तयार नाशिल्ल्यांची संपत्ती काडून घेवंन ती धर्मांतर करतल्याक दिवप, तशेंच हेर फायदे करून दिवप ह्याय तंत्राचो तेन्ना वापर जालो. आनी कांय प्रमाणांत ह्या फायद्याखातीर आपखोशेचीं धर्मांतरां जालीं आसू येता अशें जाणकारांक दिसता. हें कांय प्रमाणांत खरें आसलें तरी धर्मांतरासारकें धार्मीक परिवर्तन हे समान्यतायेन भौतीक फायद्या – तोट्याचेर जायना. तशेंच सुमार २५० वर्सां धर्म छळ चलिल्लो ते पळयल्यार लोकांचेर बळ जबरीचोच प्रयोग चड जाला म्हणपाचें सिद्ध जाता.

कांयकडेन कुटुंबीक आनी जातीय विचारांतल्यान धर्मातरांक चालना मेळल्या. कुटुंबांतलो कोणा एकाचें बळजबरीन धर्मांतर जालां आसत तर ताच्या कुटुंबांतल्या जातींतल्या हेर वांगड्यांनी ताका बहीश्कृत करून ताची कुटुंबांत परतुपाची वाट बंद केल्या. कांय कडेन बांयच्या उदकांत वा घराचेर दुकरा मांस वा तत्सम वस्त उडयल्याउप्रांत तें आख्खें घर बाटलें अशें समजून त्या घरांतल्या मनशांक तांच्या नात्या-गोत्यांतल्या मनशांनी आपणापासून तोडल्यां.

पुर्तुगीज भारतांत येवचेपयलींच हांगा किरिस्तांव धर्म आसलो हें जरी खरें आसलें, तरी पुर्तुगीज सत्ता आनी ते सत्तेवांगडा चलिल्ले इन्क्विझिशनावरवीं गोयांत धर्मातरांतल्यान किरिस्तांव समाज निर्माण जालो. तशेंच धर्मछळाच्या भंयान त्यावेळार जायतीं कोंकणी कुटुंबां घर-दार सोडून रातोरात गोंयाभायर सरून कोंकण, घांटमाथे, कर्नाटक, केरळ सारक्या शेजारच्या प्रदेशांनी वचून स्थायीक जालीं.

– सं. मं.

इन्स्टिट्यूट मिनेझीस ब्रागांझ : सामाजीक, सांस्कृतीक कार्य करपी, राज्य पांवड्यावयली, सरकारी अनुदानाचेर चलपी, गोंयची एक नामनेची संस्था. ही संस्था पणजी (गोंय) ह्या गोंयच्या राजधानी शारांत आसा. हिची स्थापना पुर्तुगीज राजवटींत, पुर्तुगीज शासनान, २४.११.१८७१ दिसा केल्ली. तेन्ना तिचें नांव 'इन्स्तित्यूत वास्कु द गाम' अशें पुर्तुगीज सागरी अधिकारी 'वास्कु द गाम', हाच्या उगडासाक दवरिल्लें. गोंय स्वतंत्र जातकर, ९ जुलय १९६३ दिसा आदलें नांव बदलून 'इंस्टिट्यूटन मिनेझीस ब्रागांझ' अशें दवरलें. व्हड गोंयकार देशभक्त, विचारवंत आनी लेखक लुईस द मिनेझीस ब्रागांझ, हाचें पंचविसावे पुण्यतिथीनिमतान, ताचें स्मारक म्हणून हे नव्यान नामकरण केलें. पुर्तुगीज नेमाखाला (Portaria Provincial no. ३३२) अस्तित्वांत आायिल्लें हे संस्थेचे अस्तित्व, गोंय विधान सभेंत १९९७ त, बील (Bill No. १४,१९९७) पास करून, सोंपयलें आनी नव्या काळाक धरून, रजिस्ट्रेशन ऑफ सोसायटी ॲक्ट १८६० खाला नवी सोसायटी घडोवन हे संस्थेक एक सोसायटी अशें नवें अस्तीत्व प्राप्त जालें. १९९७ पयलीं हे संस्थेची कारभार २४ अधी सदस्य (फेलो) चलयताले. उप्रांत तिचो कारभार, सोसायटी ॲक्ट प्रमाण, सरकारी नियुक्ती आनी संस्था प्रतिनिधी सदस्यांचे वतीन चलपाक लागलो.

ही संस्था सरकारी अनुदानाचेर आनी नियंत्रणाखाली चलता आनी तिचो एकंदर आनी दिसपट्टो कारभार तीन वर्सांच्या काळाखातीर घडयल्लें, कार्यकारी मंडळ चलयता. हे कार्यकारी मंडळ फकत थारायल्ल्या संस्थेच्या वांगड्यांनी (सरकारी आनी संस्थांचे प्रतिनिधी) आपणामदीं घडोवचें आसता. संस्थेचेर वांगडी घेवंक थारावीक संस्थांची निवड केल्ली आसा. त्यो संस्था अशो आसात :

१) गोंय सरकार २) संपादक गिल्ड ३) गोमन्तक मराठी अकादेमी ४) गोवा कोंकणी अकादेमी ५) गोमन्तक साहित्य सेवक मंडळ ६) गोमन्तक राश्ट्रभाशा विद्यापीठ ७) गोवा विद्यापीठ ८) संस्कृत प्रचारिणी सभा

ह्या संस्थाभायर, इन्स्टीट्यूट, समान उद्दीश्टां आशिल्ले राश्ट्रीय तशें आंतरराश्ट्रीय संस्थेक असोसिएट वांगडी म्हणून निमंत्रीत करुंक शकता. तशेंच इन्स्टिट्यूटच्या कार्यासंबंधीत मळार देखदेणो वावर करपी नामनेच्या व्यक्तीक मानद सदस्यत्व दिवंक शकता.

कार्यकारी मंडळाचेर (Managing Committee) सरकार नियुक्त अध्यक्ष, वांगड्यांनी आपणांमदसून वेंचिल्लो उपाध्यक्ष, आनी वांगडी म्हणून संपादक गिल्डचो अध्यक्ष, गोमंतक मराठी अकादमी – अध्यक्ष, गोवा कोंकणी अकादेमी – अध्यक्ष, गोमंतक साहित्य सेवक मंडळ – अध्यक्ष, गोमन्तक राश्ट्रभाशा विद्यापीठ अध्यक्ष, संस्कृत प्रचारिणी सभा – अध्यक्ष, वित्त सचिव, गोंय सरकार, आनी सदस्य सचिव म्हणून गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती खात्याचो संचालक आसता.

ही संस्था, भास, साहित्य, संस्कृताय अशा साबार मंडळाचेर, साबार भाशांनी आनी राज्य, राश्ट्र आनी आंतरराश्ट्रीय मळार वावर करता. हे संस्थेन वेंचीक अशी संसोधनात्मक प्रकाशनांची निर्मिती केल्या. १) गोंय आनी कोंकण प्रदेशासंबंधी संशोधनात्मक बरपावळ आशिल्लें बुलेटीन (पुर्तुगीज) २) गोंयच्या दायजाचेर अभ्यासकांच्या संशोधनात्मक लेखांचे आस्पाव आशिल्लें ''गोवा पुरी'' नियतकालिक

(इंग्रजी) ३) अर्मांद मिनेझीस आनी ताची बरपावळ (इंग्लीश) ४) गोंयचो सामाजीक आनी सांस्कृतीक इतिहास (इंग्लीश) ५) फारार – फार : गोंयचो राजकीय इतिहास (इंग्लीश) ६) संत सोहिरोबा आंबिये (मराठी) प्रकाशन सहभाग ७) समग्र शेणै गोंयबाब (कोंकणी) प्रकाशन सहभाग., हीं कांय महत्त्वाची प्रकाशना आसात.

इंस्टिट्युशकडेन खूप आदल्या काळांतलीं मोलादीक पेंटींग्स आनी कला वस्तू आसल्यो. १९९७ त, संस्थेचे कारभार, गोंय सरकाराकडेन येतकीर, हीं पेंटींग्स आनी कला वस्तू, गोंय सरकाराच्या वस्तू संग्रहालयांत दवरल्या.

– सं. मं.

इफ्फी (IFFI) International Film Festival of India – भारतीय आंतरराष्ट्रीय सिनेमा महोत्सव : भारतांतलो सगळ्यांत व्हडलो असो आंतरराष्ट्रीय सिनेमा महोत्सव. आतां मेरेन (२०१०) अशे एकेचाळीस महोत्सव भारतांत जाले. पयलो महोत्सव, १९५२ त मुंबय जालो. १९६३ त पॅरिसच्या आंतरराष्ट्रीय फिल्म फेडरेशनाकडल्यान भारतीय महोत्सववाक अधीकृत मान्यताय मेळली आनी भारतांतलो हो महोत्सव कान्स (फान्स), बर्लीन (जर्मनी) व्हेनीस आनी टोरोन्टो हांगा जावपी आंतरराष्ट्रीय सिनेमा महोत्सवाचे बरोबरिचो जावंक पावलो. मुंबय, दिल्ली, अशा फिल्म नगरिनीं जाले उप्रांत २००४ सावंन, म्हणजे पस्तीसाव्या महोत्सवासावन, हो महोत्सव दर वर्सा गोंयची राजधानी, पणजी हांगा जाता. सिनेमा महोत्सव संचालनालय (भारत सरकार), आनी माहिती आनी प्रसारण मंत्रालय (भारत सरकार) ह्यो राश्ट्रीय अधिकारिणी, गोंयची थळावी गोंय मनरिजवण संस्था (गोंय सरकार) हिच्या पालवान हो महोत्सव आयोजीत करता. संसारीक सिनेमा. वेवसायाची मान्यताय लाबिल्लो हो आशिया खंडांतलो सगळ्यांत व्हडलो सिनेमा महोत्सव आसा.

सुमार इकरा दीस चलपी ह्या महोत्सवांत, राश्ट्रीय – आंतरराश्ट्रीय फिचर फिल्मां, व्हडलीं – ल्हान फिल्मां, माहिती – पट, अशीं सुमार ६० देशांतलीं ३०० फिल्मां, ११ थेटरांनी प्रदर्शीत जाता. तेभायर फिल्म – बाजार, ल्हान फिल्म केंद्र, फिल्म निर्मिती कार्यशाळा, फिल्म – गांव, फिल्म निर्मिती – चर्चा, फिल्म प्रिमियर्स आनी मनोरंजनाच्यो कार्यावळी हांचो आस्पाव जाता. ह्या फिल्म फेस्टीवला सुवातेक तेंकून आशिल्ले मांडवी न्हंयचे देगेर, सर्वसामान्य लोकांखातीर मनोरंजनाच्यो कार्यावळी आनी खाणांची वेवस्था करता.

इफ्फीचें बोधचिन्न

ह्या महोत्सवांत, खाशेलें भारतीय सिनेमाचें दालन आसता आनी ह्या दालनांत हेर भारतीय भाशावांगडा कोंकणी फिल्माचोय आस्पाव आसता.

हो महोत्सव निखटो सिनेमा – प्रदर्शना पुरतो उरना. ह्या महोत्सवांत प्रदशीत जावपी सिनेमांचें परिक्षण खासा नेमिल्ल्या, आंतरराश्ट्रीय नामनेच्या जाणकाराकडल्यान जाता, आनी निमाण्या समारोपाचे

कार्यावळींत निकाल जाहीर करून, पुरस्कार दिवप जाता. पयलो पुरस्कार हो भांगराचो मोर आनी रोख रक्कम, दुसरो पुरस्कार हो चांदिचो मोर आनी रोख रक्कम असो आसता. तेभायर खासा परिक्षकाचो पुरस्कार, फिल्म वा कलाकार हांकां फाव जाता.

गोंयांत जरी सिनेमा उद्योगाची व्हडलिशी परंपरा नासली, तरी फाटले सात महोत्सव (२००४-२०१०) हांगा बरे तरेन आयोजीत जाले असो महोत्सव संबंधितांची अभिप्राय आसा. आसा त्या साधन - सुविधांनी आनीक भर घातली आनी आयोजनांत थोडी सुदारणा केली तर गोंय हें ह्या महोत्सवाचें कायम केंद्र जांव येता असो जायत्या जाणांचो अभिप्राय आसा.

- सं. मं.

इरलें : पळयात : कण्णो

इस्कोन देवूळ : हरेकृष्ण पंथाचें एक देवूळ. मुंबयच्या जुहू वाठारांतल्या चार एकर जमनीर पातळिल्ल्यो देवळाचे समुह १९९८ त पुराय जालो. The International Society for Krishna Conciousness (ISKCON) ही आंतर राश्ट्रीय पंथ संस्था (आध्यात्मीक संस्था) अमेरिकेच्या न्यूयॉर्क शारांत सुरू जाली. भगवदगीतेच्या संदेशाचो प्रसार करपाक ही संस्था भक्तीवेदांत स्वामी प्रभु पदा हाणे सुरू केल्ली. अशी सुमार ४० इस्कोन देवळां भारतभर आसात आनी थंय प्राचीन वैशणव परंपरा, तिचें तत्त्वगिन्यान आनी आचार हाची शिकवण दिता. हीं देवळां श्री कृष्णाक अर्पण केल्यांत. ह्या देवळांनी राधाकृष्ण, सीता, राम लक्ष्मण आनी चैतन्य महाप्रभूचेर आदारीत प्रसंगांचेर रशियन चित्रकारांनी



इस्कोन देवूळ (जुहू)

अप्रतिम चित्रां काडल्यात. हांगा किर्तन, प्रवचन, आरती, प्रसाद दर आयतारा जाता. देवळांत श्री रौरुनिताई, श्री राधा रस बिहारी आनी श्री राम - लक्ष्मण - हनुमान ह्या दैवतांची स्थापना भक्ती वेदान्त स्वामी प्रभुपाद हांणी केल्ली. देवळाची रचणूक, थंयची सोबितकाय, थंयची भक्ती परंपरा, थंयचा आध्यात्माक पुरक असो शांत परिसर आनी भव्य सभा मंडप, व्हडलें भोजनालय तशेंच सात मजली अतिथी घराक लागून भावीक लोक ह्या देवस्थानाक व्हड संख्येन भेट दितात.

- जे. बी. मोरायस

इस्त्री (फेर्र) : कपड्यांच्यो मिरयो पयसावन कपड्यांक सोबितकाय हाडपी उपकरण. धुतिल्ल्या कपड्यांक ते सुकपाचे प्रक्रियेंतल्यान मिरयो पडटात. ह्यो मिरयो कपड्यांक वापरिल्ल्या सुताच्या धाग्याच्या गुणधर्माप्रमाण चड - उण्यो पडटात. निव्वळ सुती, जरी कपड्यांक पडपी मिरयांचें प्रमाण हेर फायबरी (fibre) कपड्यांपरस चड आसता. मिरयो पडिल्ल्यां कपड्यांक दशा उरना आनी ते आंगार उठून दिसना.

म्हणून इस्त्री करून अशो मिरयो काडटात. इस्त्री करून मिरयो काडिल्ले कपड्यांक एक आगळें रूप मेळटा आनी ते आंगार चडयतल्याच्या व्यक्तीमत्त्वाक उभारी येता.

आदल्या काळांत आधुनीक इस्त्री येवचे पयलीं, कपड्यांचो घडयो करून त्यो उशापोंदा दवरून उशाचेर न्हिदताले. न्हिदतल्याच्या भारान उशापोंदा आशिल्ल्या कपड्यांचेर दाब पडटालो आनी मिरयो मोडटाल्यो. कांय जाण दात्याची पाव वा मिरसांग वाटपाचो फातर हांच कपड्यांचेर दाब घालपाखातीर वापर करताले. उप्रांत कपड्याक गरम वस्तुचो दाब दिलो तर मिरयो बेगीन आनी चड प्रमाणांत मोडटात हाचें गिन्यान जाल्या उप्रांत एका ताटांत जळटे इंगळे घालून तें तापिल्लें ताट कपड्यांवयल्यान बोंवडावन, ताच्यो मिरयो काडप जावंक लागलें. ताचे फुडली अवस्था म्हणून मागीर इस्त्री करपाचें अधीकृत अशें लोखणी उपकरण निर्माण करप जालें. व्हड्याच्या आकाराच्या ह्या उपकरणाची तळाची बाजू सुळसुळीत आनी सपाट आसता, ताका धांपपी – उक्तें जावपी धापणें आसता. धांपणें मुखेल आंगाक बंद जावपी खिळी आसता आनी इस्त्री कपड्यांचेर चलोवपाक सोपी जावंची म्हणून धापण्याचेर लाकडी मूठ (Handle) आसता. ह्या उपकरणाच्या पोटांत कट्ट्यांचो जळटे इंगळे (उजो) घालून ताचो तळ गरम करतां. इंगळ्याचो उजो आस म्हणसर, इस्त्रीचो तळ हून उरता आनी तो मेरेन कपड्यांक इस्त्री मारप जाता. तळ थंड जालो तर पर्थून कट्ट्यांचे पेट्टे इंगळे



कोळशाचेर चलपी



विजेर चलपी

घालून पर्थून इस्त्री तापयतात. आतां विजेचेर गरम जावपी इस्त्री आयल्यात, आनी तांचो सर्रास वापर जाता. इस्त्री करून दिवपी दुकानांनी मात अजूनय विजेच्या इस्त्री वांगडा, उज्या – उंगळ्याच्या इस्त्रीचो वापर चालू आसा.

– सं. मं.

इस्पिकांचो खेळ : पत्त्यांच्या (कार्डांच्या) खेळांतलो एक लोकप्रिय प्रकार. हो घरांत बसून खेळपाचो खेळ. दादले, बायलो तशे भुरगे हो खेळ खेळटात. पत्ते (पानां) कागदी पुठ्ठ्याचे वा प्लास्टिकाचे आसता. तांचेर एकेवटेन चिन्नां आनी आंकडे आसता तर दुसरे वटेनची बाजू नक्षीकामान वा चित्रांनीं सजयल्ली आसता. बदाम (हार्ट), इस्पीक (स्पेड), किलवर (क्लब) आनी चौकट (डायमंड) ह्या चिन्नांचे दरेकी १३ पानां मेळून वट्ट बावन्न पानां एका संचांत (पॅक) आसता. बदाम आनी चौकट ह्या चिन्नांचो रंग तांबडो आनी इस्पीक आनी किलवर ह्या चिन्नांचो रंग काळो आसता. दर एका चिन्नाच्या १३ पानांमदीं, एको, दुको, तिको, चवको, पांचको, सको, सातको, आठको, णवको आनी धाको हीं आंकड्याचीं पानां (न्युमरल कार्डस्) आनी राजा, राणी, गुलाम हीं तीन दरबारी पानां (कोर्ट वा फेस कार्डस्) हातूंत वांटिल्लीं आसता. दरेका संचांत दोन पानां जोकराचीं आसता.

सद्याचे अवस्थेंतलो इस्पिकांचो खेळ हो परदेशी आसलो, तरी ताचो उगम भारतांत जाला अशें कांय जाणांचें मत आसा. आदल्या काळांतलो दशावतारी गंजीफा, आनी बुद्धीबळ हातुंतलीं चिन्नां (राजा, प्रदान, वझीर) हांचे इस्पिकांतल्या पानांवयल्या चिन्नांकडेन साम्य मेळटा आशिल्ल्यान इस्पिकाचो उगम भारतांत जाला असूं येता. भारतीय गंजीफा खेळांतलीं दशावतरांचीं चिन्नां १) मत्स्य (काळें नुस्तें) कूर्म (नारिंगी कासव), ३) वराह (पाचवो शंख) ४), मारुती (धवी गदा), ५) वामन (निळी – झारी), ६) परशुराम (तांबडो परशू), ७) जगन्नाथ (तांबडो साळकाचो कळो), कल्ली (तांबडी तर साद) अशीं आसात. ह्या चित्रप्रकाराक गांजीफा चित्र प्रकार म्हण वळखताले आनी तीं चित्रां थळावे चित्रकरा काडटाले आनी तातूंत प्रदेशाप्रमाण विविधताय आसताली. महाभारतांत पाशांच्या खेळाचो जुगार (द्युत) चलतालो तोय अशेच तरेचो खेळ आसलो. पानांची / माशांची रचणूक, तांचेवयलीं चिन्नां आनी खेळपाची पद्दत हांच्या संदर्भांतल्यान विचार केल्यार इस्पिकांचो खेळ आनी भारतीय अशे तरेचे खेळ हातूंत सारकेंपण दिसता आशिल्ल्यान ह्यो खेळाचें मूळ भारतांत आसपाची शक्यताय आसा. वा अशा चिन्नांचो वापर संसारांत सगळेचकडेन, समांतरपणान जावपाची शक्यताय न्हयकारूंक जावंची ना. अशेच चिन्नांचे परंपरेंतल्यान इस्पिकांचो खेळ ही अशा खेळांची नवी आवृत्ती म्हणून परदेशांत विकसीत जाली आनी थंयच्यान ती भारतांत पावली अशें म्हणपाक हरकत ना.

वेगवेगळ्या देशांतल्या इस्पिकाच्या पानांचेर वेगवेगळी चिन्नां आसतात. कांयकडेन कप, चलन, तरसाद, घांट, पान, फळ सारकीं चिन्नां आजय वापरांत आसा. भारतांत प्रचलीत आशिल्लीं बदाम, किलवर, चौकट आनी इस्पीक हीं ब्रिटीशांकडसून आयलीं, तरीय तीं मुळची फ्रान्सांतलीं आसात.

इस्पिकांच्या खेळाचे अनेक प्रकार आसात. कांय खेळ नशिबाचेर (योगायोगाचेर) तर कांय खेळ

खेळगड्यांचे कुशळटायेचेर आदारून आसतात. पत्त्यांचे लोकप्रिय प्रकार अशे आसात. पांच – तीन – दोन, मुंगूस, बूर्र, ब्रिज, पोकर, रमी, पेशन्स, सॉलिटॅर, व्हिस्ट, सात हाती, विझिक, पिकेट, बदाम सत्ती, गुलामचोर, कोट, मेंढी कोट, जोड्यो. चडशा खेळांनी एक्याक सगळ्यांत चड गूण, तर दुक्याक सगळ्यांत उणे गूण दिल्ले आसता. कांय खेळांनी मात एक्याक एकच गूण आसता. राजा राणी हांका धा परस चड गूण आसता. जोकराक केन्ना म्हत्व दिता, तर केन्ना ताका म्हत्त्व नासता.

इस्पिकांच्या पानांचो चडकरून मनोरंजनाच्या खेळा खातीर उपेग जाता आसलो, तरी कांयजाण तांचो पयशांच्या जुगाराखातीर वापर करतात. कांयजाण जादू करपाक, तर कांय जाण भविश्य सांगपाक हीं पानां वापरतात. भुरगीं इस्पिकांच्या पानांची मांडणी करून इस्पिकांच्या पानांचे बंगले तयार करतात. मात्सो वारो लागलो वा कोणाचो हात तेंकलो तर हे बंगले कोंसळटात. हाचेवयल्यान कोणेनय उखलापें काम केलें, वा काल्पनीक मनुसुबे केले वा खंयचीय वस्त कांय न्ही कशी. कोंसळली तर पत्त्यांच्या (इस्पीकांच्या) पानांच्या बंगल्यावरी कोंसळली अशें म्हणटात.

जोड्यांनी खेळपाची रीत : सुरवातीक एकटो कोणूय कार्ड रांगेत / वळींत पसरायता. तातुंतलें एक-एक कार्ड तीन-चारूय जाण काडटात. जाचें कार्ड व्हडलें आसता ताका वांटणी पडटा. हो खेळ खेळपाची तरा वा पद्दत बुर्राच्या खेळासारखीच. वांटणी करपी खेळगडे आपले दावे वटेच्यान ५-५ वा ३-३ कार्डां सगळ्यांक घालता. मागीर तो एक कार्ड जमनीर उदारें (आरतें) दवरता आनी त्या कार्डाचेर उरिल्लीं सगळीं कार्डां परतीं मारता / दवरता. वांटणी ज्या खेळगड्याकडच्यान सुरू केल्ली तो खेळगडो आनी बाकीचे सगलीं पयलीं जोड्यो जाल्लीं कार्डां काडून सकयल दवरतात. दोन कार्डां आयलीं जाल्यार एक जोडी जाली. ती मागीर खंयच्याय रंगाची आसल्यार जाता. दुसरें म्हळ्यार एकाच नंबराचीं वा अक्षराचीं कार्डा आयलीं जाल्यार दोन कार्डांची एक जोडी जाता. (देखीक, दोन चवके वा आठके, दोन राणयो, दोन गुलाम बी). उरिल्लीं कार्डां तशींच दवरप आनी तेच खुणेचें दुसरें कार्ड (खंयच्याय रंगाचे) आसलें म्हणटकीच जोडी लावप. हें सगळें खेळ सुरू करचे आदीं करप. जोड्यो जाल्ल्यो आसात जाल्यार पयलींच कुशीक काडून दवरप. वांटणी सुरू जाल्ली त्या खेळगड्यान एक जमनीवयलें कार्ड ओडप. जर त्याच अक्षराचें, नंबराचे कार्ड आसत जाल्यार जोडी जाता आनी नासत जाल्यार तें कार्ड तशेंच दवरप. हो नेम





इस्पिकांची पाना घेवन तयार केल्ली इमारतीची प्रतिकृती.

सगल्या खेळगड्यांक लागता. सगळें खेळगडे एक-एक पान, कार्ड ओडटात आनी जाता तशी एक-एक जोडी जमनीर दवरतात. जाची कार्डां पयलीं सोंपतात तो पयलीं सुट्टा आनी जर निमाणें जमनिवयलीं सगळीं कार्डां जोडयो जाल्योनात जाल्यार तांणी एकामेकाचीं पानां ओडपाची. पयल्या खेळगड्यान दुसऱ्या गड्याचें खंयचेंय एक कार्ड काडपाचें. जोडी जाली जाल्यार बरें आसा नातर तशेंच दवरप. दुसऱ्यान तिसऱ्याचे आनी तिसऱ्यान चवथ्याचें अशें चक्राप्रमाण घुंवत रावता. खेळून खेळून निमाणेकडेन दोगूच जाण उरतात. एकट्याकडेन दोन कार्डां जाल्यार दुसऱ्याकडेन २ उरतात. पयलो खेळगडो दुसऱ्या खेळगड्याकडच्यान एक कार्ड घेता आनी आपली जोडी करता आनी तें पान कार्ड घेवपी खेळगड्याक वांटणेक पडटा.

पैशांनी खेळपाची रीत : हो खेळ खेळपाक दोनूच खेळगडे आसतात. म्हणजे एकटो कार्डां पातळायता तातुंतलो एक-एक कार्ड काडटात. जाचें कार्डं व्हडलें येता ताका वांटणी पडटा. वांटणी वा कार्डां घालचे पयलीं चारूय एके, राजा, राणी आनी गुलाम काडून कुशीक दवरप आनी मागीर कार्डां वांटप. कुशीक काडून दवरिल्ल्या १६ पानांक - (कार्डांक) पयशे अशें म्हणटात. ते पयशे दोगूय खेळगडे सारके वांटून घेतात. देखीक (२ राजा, २ एके, राणी, गुलाम) पयशे हेर वांटिल्ल्या कार्डांत मिक्स करपाचे नात, तर ते कुशीक दवरपाचे. हेर

कार्डीं हातांत उरफाटीं धरपाचीं आनी एक – एक कार्ड जमनीक उदारें (आरतें) उडयत रावपाचें. दोनय खेळगड्यांनी एक – एक कार्ड प्रकार – एक उडयत रावपाचें. खेळटा–खेळटा दोगांयचींय कार्डीं एकाच नंबरांची वा अक्षरांची आयलीं जाल्यार दुसरें कार्ड पडलां त्या खेळगड्याक जमनिवेलीं सगळीं कार्डीं मेळटात आनी जर तो तीं कार्डीं त्याच वेळार काडपाक चुकलो जाल्यार ताका मागीर ती कार्डीं काडपाक मेळनात. खेळटां–खेळटां एकट्या खेळगड्यांचीं कार्डीं सोपतात. तेन्ना ताका आपले पयशे दिवन कार्डीं विकतीं घेवचीं पडटा. देखीक एक्याक २० कार्डीं, राजाक १५ कार्डीं, राजयेक १० कार्डीं आनी गुलामाक ५ कार्डीं. कार्डीं विकती घेयत रावत जाल्यार पयशे सोंपतात आनी जाचें पयशें सोंपतात तो हरता आनी खेळ सोंपता.

बुर्रानी : 'बुर्' ह्या उतराचो अर्थ गाढव (Donkey). गाढव हो तकलेक साप्प बुद्ध, मूर्ख आसता अशें मानतात. जाचेकडेन चड कार्डीं उरतात तो बुद्धू, मूर्ख हाचेवेल्यान ह्या खेळाक नांव पडलां.

खेळपाची रीत : सगळ्यांत पयलीं तिगां वा पांचांमदल्या एकट्यान कार्डीं किसप आनी एके रांगेंत पातळावप. पातळायिल्ल्या कार्डांमदलें एक–एक कार्ड सगळ्यांनी काडप. जाचें कार्ड व्हडलें आसता ताका / ताचेर वांटणी पडटा. वांटणी पडिल्लो खेळगडो आपले दावे वटेच्यान वांटपाक सुखान करता आनी आपलेकेडन पावतकीर थांबता / रावता. ह्या खेळांत तीन फेरयांनी कार्डीं घालपाचीं आसतात. तिनूय फेरयांनी एक–एकच कार्ड घालपाचें. सगळ्यांक तीन–तीन कार्डीं घालून जातकीच एक कार्ड मद्दीं उदारें दवरप आनी उरिल्लीं सगळीं कार्डां तशींच परतीं मारप. कार्डीं पयलीं घेतिल्ल्या खेळगड्यान खेळपाक सुरूवात करप. सुरवातीक सगळ्यांनी जमनीर दवरिल्ल्या कार्डीं सारकेंच कार्ड खेळप. जर तसलें कार्ड ना जाल्यार परतीं दवरिल्लीं कार्डीं ओडपाक लागप. जमनीर दवरिल्लें कार्ड येसर ओडीत रावपाचें. जर तें कार्ड आयलें जाल्यार खेळपाचें आनी ताचे फाटल्यान दुसरो कोणूय खेळपाक आसा जाल्यार ताणें खेळपाचें आनी ना जाल्यार तसलें कार्ड येसर ओडीत रावपाचें. दुसरें खेळिल्लें कार्ड आपल्याकडेन ना जाल्यार जमनिवयली परतीं दवरिल्लीं कार्डीं ओडीतूच रावपाचें. जर कोणय एकटो खंयचेंय कार्ड खेळ्ळो आनी तें कार्ड दुसऱ्याकडेन ना जाल्यार ताणें जमनिवयलीं कार्डीं ओडपाचीं. जर तीं कार्डीं ओडटां–ओडटां सगळीं सोंपली पूण जाय तें कार्ड मेळ्ळें ना जाल्यार (जें ताचेकडेन ना तें) आपलेकडेन दवरचें पडटा. ताणें सगळीं कार्डीं आपलेकडेन दवरले उपरांत पयलो खेळगडो परत आपल्याक जाय तें कार्ड खेळटा. त्या कार्डांचेर मागीर सगळ्या खेळगड्यांनी खेळपाचें. जर खेळटां–खेळटां एक खेळगड्याची कार्डीं सोंपलीं जाल्यार तो सुटलो अशें म्हणटात. तो सुटले उपरांत उरिल्ले खेळगडे आपले डावाप्रमाण खेळटात. तीग जाणांतलो एकटो सुटलो म्हणजे २ जाण उरतात. त्या दोग जाणांतल्यान जर एकट्यान जमनिवयलीं सगळीं कार्डीं घेतलीं आनी दुसऱ्याकडेन फक्त थोडींच कार्डीं आसत जाल्यार चड कार्डीं आशिल्लो खेळगडो आपल्यांक जाय तशें खेळपाक शकता. कित्याक तर ताका खबर आसता दुसऱ्या खेळगड्याकडेन खंयची कार्डीं आशिल्ल्यान खेळगड्याक धर–सोड, धर–सोड करपाक लायता. (धर म्हणजे ताचेकडेन जें कार्ड ना तें धर आनी आपणें दिल्ल्या त्या कार्डार सोड) ताका धर–सोड अशें म्हणटात. धर–सोड करपी खेळगडी थोडीं कार्डीं आशिल्ल्या खेळगड्याक

जेन्ना धर म्हूण कार्ड दिता तेन्ना तो धाकटें कार्ड ताका दिता आनी व्हडलें कार्ड आपलेकडेन दवरता. व्हडलें कार्ड ताचेकडेन दवरलें म्हूण पयलीं खेळपाक ताका मेळटा आनी पयलीं तोच भायर सुट्टा. निमाणेकडेन जाच्या हातांत कार्डां उरतात ताचेर बुर्र येता अशें म्हणटात.

मुंगूस : कांय लोक हो खेळ पयशे लावन खेळटात जाल्यार भुरगीं मजेखातीर, आवडीन खेळटात.

खेळपाची रीत : सुरवातेक सगळीं कार्डां जमनीर सरपट ओडप आनी तातुंतले एक - एक कार्ड प्रतिस्पर्थी खेळगड्यानी काडप. जाचें कार्ड व्हडलें आसता ताका वांटणी पडटा. पांच - पांच कार्डां घालून वांटणी करप आनी निमणें कार्ड जमनीर मद्दी आरतें /उदारें दवरप.

जर उदारें कार्ड ३ नंबराचें आसत जाल्यार ताचेर ४, ५, ६, ७... अशें कार्डांचे नंबर येयत रावतले. २ मेरेन दोनय खेळगड्यांनी एक-एक पान खेळप. खेळगड्यांनीं वाटिल्लीं सगळीं कार्डां दावेथटेन परतीं करून दवरप आनी मागीर एक - एक खेळप. खेळगड्याक चत्रायेन खेळचें पडटा नाजाल्यार तांका मुंगूस म्हण एक कार्ड दुसऱ्याकडल्यान घेंवचे पडटा. मदल्या नंबराक लागतात तीं कार्डां उजवेवटेन आरतीं दवरप आनी दावेवटेनचीं सगळीं कार्ड सोंपतकीच उजवे वेटनचीं परतीं करून परत खेळपाक लागप. मदीं लायिल्ल्यान नंबराचेंच दुसऱ्या रंगाचें कार्ड आयलें जाल्यार तें मदीं दवरप. अशेंतरेन चारूय रंगांची एकाच नंबराचीं कार्डां मदीं लावप आनी तांचेफुडें दुसरीं कार्डां लायत वचप. निमाणेकडेन ज्या खेळगड्याकडेन पानां/कार्डां उरतात तो म्हार जाता आनी ताका वांटणी पडटा. ताचेर मुंगूस पडलें अशेंय म्हणटात.

मेंढीकोट : हो खेळ लोक घरांत, वासरेंत खेळटात. तशेंच ट्रेनींत, पिकनिकेक वेळ पासार करूंक खेळटात. हो खेळ क्लबांतूय खेळटात. एक शिक्षणीक साधन म्हूण पत्त्यांचो उपेग केल्लो दिश्टी पडटा. इतिहासात, भुगोल, खगोलशास्त्र हांचे शिक्षण दिवपाखातीर खास शिक्षणीक पत्ते तयार केल्यात.

खेळपाची रीत : खेळाचे सुरवातीक सगळीं कार्डां जमनीर पातळावप आनी तातुंतलें एक-एक कार्ड सगळ्यांनी काडप. ज्या खेळगड्याचें कार्ड व्हडलें आसता ताका वांटणी पडटा. वांटणी पडिल्ले खेळगडे आपले दावे वटेच्या खेळगड्याक काप मार म्हूण सांगता. (काप म्हणजे सगळीं कार्डां दोनकडेन विभागपाची) वांटणी सुरू केल्या त्या खेळगड्याकडच्यान खेळाक सुरवात जाता. त्या खेळगड्यान आपल्याक जाय तें कार्ड खेळप. पूण वांटणेचे पयले फेरयेक एक कार्ड लिपोवन दवरप (ट्रंप्स). तो खेळटा तसलेच तरेचें (देखीक किलवर, बदाम) कार्ड हेर खेळगड्याक खेळचें पडटा. जंय खंयच्याय खेळगड्याक मेंढी मारपाक जाय जाल्यार १० परस कमी नंबराचीं कार्डां आसल्यारच ताणें मारची पडटात. जर अशें केलेंना जाल्यार ती मेंढी दुसऱ्याक वता. ह्या खेळांत ट्रंप्स. मेंढी आनी एक्याक चड म्हत्व आसता. जे जोडयेचें कार्ड व्हडलें आसता ते जाडयेक तो हात (दस्त) वता. ट्रंप्स ओपन करता त्या खेळगड्याक तसलेंच कार्ड खेळचें पडटा. जर तसलें कार्ड ताचेकडेन ना जाल्यार दुसरें कार्ड खेळचें पडटा.

आपल्या साथीदारान जर व्हडलें कार्ड वा ट्रंप्स कार्ड मारलें जाल्यार दुसऱ्याक मारपाक हरकत ना. कित्याक तर ती मेंढी ताकाच येता. खंयचोय हात वा मेंढी आपल्याक घेवपाक जाय आनी तसलें कार्ड

आपलेकडेन नाजाल्यार ट्रंप्स खेळटकीच, ती मेंढी वा हात येता. निमाणेकडेन जे जोडयेचे हात आनी मेंढ्यो थोड्यो थोड्यो जातात तांका वांटणी पडटा. उण्यांत उणी एक मेंढी आयली जाल्यार बरें. फक्त वांटणी पडटा. पूण जर एकय मेंढी आयलीना जाल्यार कोट पडटा.

– सं. मं.

जोडयांनी :

नेम आनी अटी : १) प्रत्येक वांगडी एक खेपे एकच कार्ड घेता. २) एक कार्ड घेवन जोडी जायना जाल्यार नाका आशिल्लें कार्ड जमनीर वडयता. हे खेळ चड करून पावसाच्या दिसांनीं खेळटात. जेन्ना भायर धो–धो पावस पडटा अशा वेळार भायर खेळूंक वचूंक मेळना तेन्नां खेळाची उमेद इस्पीकांचे खेळ खेळून भागयतात.

खेळपाची पद्धत/रीत : सुरवेक खेळप्यांमदलो कोणय एकलो बार्रेजाचीं ५२ कार्डां ओमथीं जमनीर पसरायता. आनी दरेकलो तांतलें एक/एक पान काडटा. आनी उदारें करून स्वतः मुखार दवरता. जाचें कार्ड व्हडलें आसता तो कार्डां पिसून वाट्टा. दरेकल्याक एक–एक अशे दावेवटच्यान सुरावत करता. हे तरेन ३–३ वा ५–५ कार्डां पानां वाट्टात. कार्डा वाट्टना ओमथीं धरून वाट्टा. एकेकडेन उरील्लीं कार्डां दवरता. उदारें दवरिल्ल्या नंबराचें कार्ड (खंच्याय चित्राचें) वांगड्यांकडेन आसल्यार त्या कार्डाची हेर खंच्याय कार्डाकडेन जोडी जाता.

सगळे वांगडी तांकां वांटील्ल्या कार्डांच्यो जितल्यो जोडयो जातात तीं पानां/कार्डां सकल स्वतः म्हज्यांत दवरतात. दोन कार्डां एक सारखीं आयलीं जाल्यार जोडी जाता. ती मागीर खंच्याय रंगाचीं आसल्यार जाता. देखीक दोन एके, दोन चवके, वा दोन राजा बीं.

सकल बार्रेजा पोंदा दवरिल्ल्या कार्डाचो नंबर ७ आसल्यार वांगड्यांकडेन आशिल्या ७ नंबर कार्डाक खंयच्याय नंबराचें कार्ड लावन जोडी करतात. दोन सात नंबराचीं कार्डां आयल्यार तांकां आनी खंचेंय कार्ड लावन दोन जोडयो करतात.

प्रत्येकान स्वतःची जोडी जाल्ली पानां सकळ दवरतकीर पयलीं दाव्यान आशिल्ले गडी जमनिवेल्या बार्रेजांतलें वयलें एक पान काडटा, आनी स्वतःच्या कार्डाकडेन व्हरून जोडी जाता जाल्यार पळयता. (त्याच नंबराचें कार्ड आसल्यार जोडी जाता.) ह्या कार्डांत जोडी जाली जाल्यार खंचेंय नाकाशिल्लें कार्ड जमनीर उदारें वडयता. जायना जाल्यार तेंच वडयता.

ताज्या फुडल्या वांगड्याक दोन संदी मेळटात. पयली त्या वांगड्यान उदारें वडइल्लें कार्ड स्वतःच्या कार्डाक जोडी करूंक उपेगी पडटा वा ना तें पळयता आनी जोडी जाता जाल्यार घेता. आनी जायना जाल्यार बार्रेजांचें वयलें कार्ड घेता. हे तरेन खेळ मुखार वता.

५/५ कार्डां वाटलीं जाल्यार जमनीवेले कार्ड काडटकीर जोडयो जातात. ३/३ कार्डां वांटली जाल्यार दोन जोडयो जातात. खेळटना जमनीवेली ओमथीं पानां सोपलीं जाल्यार उदारीं वडइल्लीं एकठांय करून परत ओमथी दवरतात आनी उरिल्ले एक एक काडून खेळटात. निमाणे जो एकलो जोडयो जावपाचो उरता ताजेर हार पडटा.

फायदो : चपळताय, विचारांची हुशारी वाडटा, सांघिक भावना वाडीक लागता. हें सगलें फाविल्ल्या वेळांत जाल्यान त्या वेळाचो सदुपयोग जाता.

– एन. सुहास

ईद : मुसलमान लोकांचो एक मुखेल सण. ईद–उल्–फित्र (रमझान ईद) आनी ईद–उल्–अज्हा (बकरी ईद) हे दोन मुसलमान लोकांचे सण.

बक्रईद (बकरीईद) : मुसलमान लोकांचो एक मुखेल सण. ताका ईद अल अदहा, ईद अल–कुर्बान, ईद अल–नहर, ईद अल – कबीर अशीं हेर नांवां वेगवेगळ्या इस्लामी देशांनी रुढ आसात. तुर्कस्तानांत ताका 'बुयुक – बराम' वा 'कुर्बान बैरामि' अशें म्हणटात. ह्या दिसा, झुल – हिज्जह (जिल्हेज) म्हयन्याच्या धाव्या दिसा पशुबळी दिवपाची जी चाल आसा ती मुळांत अरबांनी हाडलीं. मक्के लागसारच्या मिना नगरांत सगळे यात्रेकार हो बळीचो विधी पुर्वापार मनयतात. हो विधी फक्त हाजेची भोंवडी करपी मिनास हेच करिनात जाल्यार सगळे 'साहिबेनिसाब' (म्हळ्यार गरजेपरस साडेसात तोळे भांगर वा साडेबावन तोळे रुपें ज्या मनशाकडेन चड आसता तो) मुसलमान ह्या दिसा हो उत्सव, आसा थंय आपले कुवती प्रमाण मनयता. दर एका मुसलमान मनशाक धर्मीक नदरेन हो विधी मनोवप हें विहित आनी गरजेचें कर्तव्य मानलां. कुराणांत ह्या विधीविशीं उल्लेख मेळटा.

पशू विकतो घेवपाची ऐपत आशिल्ल्या साहिबेनिसाबाब दर एकल्यान एक मेंढरूं वा धर्मीक नदरेन योग्य थरयल्लो खंयचोय पशू वा सात मनशांफाटल्यान एक ऊंट बळी दिवचो पडटा. हो पशू थरावीक पिरायेचो आनी अव्यंग आसचो पडटा. सलात अल ईद सावन सुरू जावपी हो बळीविधी फुडें तीन दीस म्हळ्यार 'एयाम अल् तश्रीफ' मेरेन चलता. ह्या प्रसंगा वेळार 'तस्मिया' (बिस्मिल्ला असो जप), 'तक्बीर' (अल्लाहु अकबर) म्हणप. पशुचें तोंड किब्लाचे (अस्तंत) दिकेन दवरप आनी बळीचो स्विकार करचो म्हणून याचना करप. बळी दितले त्या पशुच्या मासाचे तीन वांटे करून तातुंतलो एक स्वताखातीर, दुसरो सोयऱ्यांखांतीर आनी तिसरो गरिबांक वाटंपाखातीर वापरतात.



ह्या दिसा सगळे मुसलमान नवे कपडे घालतात, आनी मेकळे सुवातेर, ईदग्याचेर उदेवपा उपरांत पूण सूर्य माथ्यार येवचेंआदीं एकठांय जमतात. हेर इमामांच्या नियंत्रणाखाला भौशीक प्रार्थना (नमाज) जाता. प्रार्थनेउपरांत इमाम 'खुत्बा' (धर्मीक प्रवचन) वाचता. धर्मीक नदरेन खुत्बा आयकप म्हत्वाचें मानतात. खुत्बा वाचतकच 'ईद मुबारक' म्हणून एकामेकांक मेळटात आनी परबीं दितात. उपरांत लोक आपआपल्या घरा वचून बळीविधी करतात. मेळपाखातीर आयिल्ल्या लोकांक फराळाचे पदार्थ आनी पानसुपारी तशेंच अत्तर दितात.

रमजान ईद : मुसलमानांची एक व्हड परब. हो

सण म्हळ्यार रमाजान उपासाचीं सांगता आसता. शव्वाल हो तांचो धावो म्हयनो आसून, ताच्या पयल्याच दिसा हो सांगता करपाचें आसता म्हणून ताका 'ईद – ऊल – फित्र' अशें म्हणटात. ह्या ईदापरस बकरी ईदाचें म्हत्व चड आशिल्ल्यान ताका ईद आनी हाका धाकलो ईद अशें म्हणटात. ह्या दिसा खूब दानधर्म करतात म्हणून ताका इदुस्सदका अशेंय नांव आसा.

सकाळीं प्रार्थना जाले उपरांत पयलीं धंय – भात आनी साकरीचें जेवण घेतात. त्याच वेळार, सारको खावपाची चाल आसा. कारण महंमद आनी ताच्या घरच्या लोकांक होच पदार्थ मुखेल मेळटालो, अशी समजूत आसा. शेवयांची खीर खावपाचीय रीत आसा. हे खीरेक 'शिरखुर्मा' अशें म्हणटात.

ह्या दिसा सगळे दादले – बायलो – भुरगीं बरे कपडे आनी भांगरां शिंगरां घालून एकामेकांक मेळपाक वतात. तेचप्रमाण गांवाभायर ईदगाह (प्रार्थनेची सुवात) नांवाच्या आंगणांत जमून समुदायीक प्रार्थनाय करतात. थंय पेश इमाम (मुखेल आचार्य) खुत्बा म्हळ्यार कुटुंबीक, समाजीक आनी अध्यात्मीक कर्तव्यांचो उपदेश करता. मागीर सगळे जाण प्रार्थना करतात. उपरांत आमीन म्हळ्यार शांती असो घोश केले उपरांत कार्यक्रम सोंपता.

– सं. मं.

ईस्टर : किरिस्तांव लोकांची म्हत्वाची परब. हाका 'पास्कांची परब' अशेंय म्हणटात. पालेस्तीन देशांत रोमन आनी ज्यू लोकांनी एकठांय येवन जेजू क्रिस्ताक खुरसार जिवेशी मारलो. उपरांत तिसऱ्या दिसा (आयतार) जेजू क्रिस्त परतो जिवो जालो. ह्या पुनरजल्माच्या प्रसंगांची याद म्हूण ईस्टर मनयतात. सादारणपणान २२ मार्च ते २५ एप्रील हाचेमदीं एका विशिश्ट आयतराक ही परब मनयतात.

वसंत ऋतूंत पयले पुनवेउपरांत येवपी आयताराक ही परब मनोवची हेविशीं जायते मतभेद आसले. इ. स. ३२५ वर्सा किरिस्तांव धर्मगुरूंनी हो वाद मिटयतना २१ मार्च उपरांत येवपी पुनवेक ही परब मनोवची अशें सांगलें. लीग ऑफ नेशन्सचे कॅलेंडर कमिटीन हेंविशीं आनीक एक फावट विचार केलो. ते वरवीं १९२८ वर्सा संसदेन एक कायदो संमत केलो. तातूंत एप्रिलाच्या दुसरा आयतार, ईस्टराचो दीस म्हूण मानचो हो थाराव संमत केलो. दुसऱ्या शतमानासावन 'जेजू क्रिस्त परतो जिवो जालो, देखून सगळ्यांक दिल्ली समरादना' ह्या अर्थान हो दीस मनयतात.

अस्तंतेच्या राष्ट्रांनी ईस्टराविशीं जायत्यो आख्यायिका आनी समज चलतात. पुर्विल्ल्या अँग्लो सॅक्सन लोकांच्या मताप्रमाण ईस्टर ही ऋतूची देवता आसून तिच्या उगडासाक ही परब मनयतात. हे लोक एप्रील – मे म्हयन्यांत ही परब मनयतातले. कांय जाण हे परबेक पुर्विल्ल्या काळांत चलयतल्या विशुवदिसाचे (equinox) परबेचो वांटो मानतात. पोरने चालीचे इंग्लीश लोक ह्या दिसा सूर्य नाचता, अशें मानतात. त्या दिसा ते सुर्यावटेन तोंड करून बसतात. कांय उदक भरिल्ल्यो कळसुल्यो वा आयदनां उदकांत दवरतात. उदक हालतकच ताचेवयलें किर्ण हालता आनी तें किर्ण नाचिल्ल्यावरी दिसता. हेच तरेची चाल आयर्लंड देशांतूय चलता.

संवसारांतले सगळे किरिस्तांव लोक ही परब व्हडा उमेदीन मनयतात. इगर्जांचेर रंगरंगयाळी रोशणाय करतात. ह्या दिसा खुरीस, तांतीं, बोकडेपेटो हांच्यो प्रतीक करतात. ह्या दिसा तांतीं वांटपाची चाल

चलता. तांतयांतल्यान नवो जीव जल्मता, देखून जेजूच्या जिवो जावपाकडेन ताचो संबंद लावन हे गजालीकडे तांतीं 'कुरू' वा 'प्रतीक' हे नंदरेंतल्यान पळयतात.

हे परबेक तांतयांचीं कल्ला, कलात्मक रितीन सजयता आनी तातूंत वेगवेगळे तरेचीं खाणां भरतात.

सुमार २००० वर्सांपयलीं घडिल्ली ही येसूच्या पुनरजल्माची घडणूक म्हणजे मनीसकुळयेमुखार एक धडो आसा अशें मानतात. खुरसार मारिल्ल्या येसून भोगिल्ल्यो यातना, त्यो भोगताना ताणें दाखयल्लें साशिकपण, आनी भगसुणें आनी उप्रांत नवो जल्म ही जिविताच्या वास्तवाची देख हातुंतल्यान प्रतीत जाता आनी मनशाक संकश्टांचे निर्शेवणेंतल्यान भायर सरून फुडाराचे नवे आशेचे दिकेन विचार करपाक लायता हो संदेश हे परबेवरवीं मेळटा.

– सं. मं.

उंडी : एक वखदी वनस्पत. ह्या झाडाक उंडां नांवाचीं फळां जातात. हीं फळां एकठांय करून ताच्यो बियो सुकोवन तेल काडटात. ह्या तेलाक 'उंडेल' म्हणटात.

हीं उंडीचीं झाडां कोंकणांत कुळागरांत चड करून व्हाळाचे धडेर, न्हंयेचे देगेर पळोवंक मेळटा.

उंडेल तेल वखदी आशिल्ल्यान ताचो उपेग खूब बरे तरेन करूं येता. पांयांक कात्रे, आंगाक चवनां, शिबां, घावे जाल्या आसत तर तांचेर उंडेलाचो उपेग करूं येता. मान कणल्या आसत तर ताचेरूय उपाय केल्यार जाता. गुणाक पडटा. आदल्या तेंपार गांवगिऱ्या वाठारांनी दिव्यांखातीर पॅट्रॉल मेळप कठीण जातालें. अशा वेळार खोबरेल, भिंडेल, खश्टेल सारक्या घरचेघरा केल्ल्या तेलांचोच उपेग करप जातालो. अशा वेळार उंडेलाचोय वापर दिवो, दिवली आदी पेटोवपाक उपेग करताले. हालिंसारां नव्यो कंपनी तेलां तयार करपाक लागिल्ल्यान हळूहळू हीं गांवठी तेलां काळाभायरीं जावपाक लागल्यात.

– सं. मं.

उंडो : पुर्तुगेजांच्या काळांतलें एक बेकरीचें खाण. गंवां–मयद्याचें पीठ, माडाची सूर वा किण्व घालून उदकांत भिजोवन मळल्याउप्रांत ताचे ल्हान–ल्हान आकाराचे गुळे करताले. हे गुळे चार कोन आशिल्ल्या वा वाटकुळ्या पत्र्याच्या फॉर्मांनी दवरल्या उप्रांत ते त्या फॉर्माचो आकार घेताले. फॉर्मासयत हे गुळे उज्याच्या खोर्नांत (भट्टेंत) थारावीक वेळ दवरताले, आनी भाजल्याउप्रांत खोर्नांतल्यान काडून भाजून तयार जाल्ले उंडे फॉर्मांतल्यान भायर काडटाले.



माडाची सूर वा किण्वाक लागून उंडे बरे फुलताले. अशेतरेन भाजिल्ले उंडे मागीर पदेर (दारांदारांनी उंडे विकपी) वज्यान उंडे भरून लोकांक सकाळच्या आनी सांजच्या पाराक विकताले. माथ्यार उंड्या वजें आनी हातांत आवाज करपी दांडो घेवन पदेरालें गांवांत

भोंवप हे गांव-गाड्याचें एक आंग आसतालें. उप्रांत दांडो वचून पँक पँक करपी हातान दामून वाजपी हॉर्न आयलो. उंड्या वांगडा तेन्ना तशेच रुचीचीं कांकणां (कांकणां आकाराचें बेकरी खाण) खोर्नांत भाजताले. उंड्या वांगडा पदेर कांकणांय विकताले.

आयच्या काळांत पाव, बन पाव सारकिल्या बेकरी खाणांमुखार उंडे फाटीं पडल्यात. आजय खंय खंय, चडशे गांवांतल्या हॉटेलांनी उंडे दिसतात. पूण आदल्या काळासारको तांचो वापर सर्रास जायना. आयच्या काळांतल्या उंड्यांक आदल्या काळांतल्या उंड्याची सर (रुच) ना असोय लोकांचो अणभव आसा. हो अणभव 'ते फिरंगी गेले ते उंडे गेले,' वा 'ते पदेर गेले ते उंडे गेले' हे कोंकणी म्हणींतल्यान उक्तो जाता.

- सं. मं.

उंदराचे कान : (संस्कृत - आंखुकर्णी, गुजराती - उंदरकानी, कन्नड - उंदिरकानी, वल्लिरूहे, मराठी - उंदिरकानी, हिंदी - मुसाकानी, मुसेकानी, इंग्लीश -एमिलिया सों चीफोलिया, लॅटिन - आयपोमिया रेनिफॉर्मिस.

उंदराचे कान हें एक १२ ते १८ से. मी. लांबायेचें वालीसारकें रोप. उंदरा कानासारकीं तिचीं पानां पातळ आनी गोल आशिल्ल्यान ताका उंदरा कान हें नांव पडलां. फांदयेचे तेंगशेर नवो फांटो येता आनी मुळांय येतात. तिका युनानी भाशेंत लपसिनी म्हण्टात. केंसाळ फांद्यांचेर १.३ ते २.५ सें. मी. रुंदायेची पानां आसता. रोपाक फांद्यांचे तेंगशेर २-३ जांबळसार ल्हान देठाचीं फुलां येतात.

हाच्यो दोन-तीन जाती आसात. आंगणांत आनी एक रानांत. दोनयकडेन त्यो आसता. वेलीची पानां हातानी चोळ्ळ्यार तवश्यां सारको वास सुट्टा. रानांतल्या उंदराचे कानाचे तीन प्रकार आसात. तातूंत एके प्रकारचे वेलीक मुळांपासून खांद्यो येतात. तांचो रंग तांबडो आनी त्यो लांब आनी बारीक आसतात. हाची पानां आंगणांतल्या उंदराचेकाना परस नाजूक आनी लांब आसतात. हे फुलांचो रंग तांबडो, हळडुवो, धवो आसता. दुसऱ्या प्रकाराच्या उंदराच्या कनाक हळडुवीं फुलां आसता. तशेंच तिसऱ्या प्रकाराचे उंदराचे कान बारीक आनी धव्या रंगाचे आसतात. हीं रोपां जमनीर पसरतात.



कानाच्या विकाराक ह्या पानांच्या रोसाचो उपेग जाता. पोटांतल्या गर्मीचेर नियंत्रण हाडपाक ह्या पानांच्या रोसाचो उपेंग जाता. आंगाच्या खंयच्याय भागार कांटो शिरकून उरल्यार हाचो लेप लावचो. आंगांत उश्णता आसल्यार हाच्या बियांचें सरबत घेवचें. वखदी उपेग करचेपयलीं जाणकारांचो सल्लो घेंवचो.

- सं. मं.

उंदीर (इंदूर, हुंदीर) : स्तनी वर्गांतलो (मॅमेलिया) कृंतकांच्या (रोडोन्शिया) गणांतलो आनी मुरिडी कुळांतलो एक प्राणी. उंदराक इंग्लिशींत

'माऊस' अशें म्हणटात. उंदराच्यो कांय जाती आसात.

१) काटेरी उंदीर २) गांवठी उंदीर ३) गोंडा उंदीर (गोंदीर) ४) वृक्षवासी उंदीर ५) शेतांतले उंदीर आनी ६) कोळुंदीर

१) कांटेरी उंदीर : मस प्लॅटिथ्रिक्स हें ताचें शास्त्रीय नांव. चडकरून हें उंदीर रानांत आनी शेतांत पळोवंक मेळटा. फाटिचो रंग भुरी वा गाड तपकिरी आनी पोंदचेवटेन धवो आसता. आंगावयले सगळे केंस सपाट कांट्यांसारखे आसतात. हें उंदीर बिळाचे तोंड फातरांनी बंद करतात. तशेंच तांकां न्हिदपाखातीर फातरांनी सुवात तयार करता.

२) गांवठी उंदीर : घरात राबितो करून रावपी उंदराचे शास्त्रीय नांव 'मस मस्क्युलस'. 'मस' ह्या वंशांत सुमार १५ जाती आसात. उंदराच्या शेपडेपरस शरिराची लांबाय ५ ते ८ सें. मी. व्हड आसता.

३) गोंडा उंदीर (गोंदीर) : हे उंदीर चडकरून शेताच्या मळांनी पळोवंक मेळटा. 'टॅटेरा इंडिका' हे ताचे शास्त्रीय नांव. हो गांवठी उंदरापरस व्हड आसता. हाच्या शेपडेक केंसांचो गोंडो आसता. हाचें फाटिचो रंग पिंगसो. हो शेतांत व्हड बिळां तयार करतात हे बिळांत एक व्हडली मुखेल वाट आसता आनी ताकाय असंख्य चोरवाटो आसता. मुखेल वाटेवटेन कसलोय धोको आशिल्ल्याचो दुबाव येत जाल्यार तो चोरवाटेंतल्यान पळ काडटा. ह्या बिळांत कितल्योशोच कुडी आसता. तातूंत तो आनी ताची पिलां सुरक्षीत रावतात.

४) वृक्षवासी उंदीर : व्हॅडेल्युरिया ओलेरँशिया हें ताचें शास्त्रीय नांव. चडकरून हो झाडांझुडपांचेर रावता. ५ ते ९ सें. मी. ताच्या आंगाची लांबाय तर ८ ते ११ सें. मी. लांबाय शेपडेची. हो उंदीर चडकरून झाडाझुडपांचेर आसता, हे खातीर आपूण एखाद्या खांदेवयल्यान पडचो न्हय म्हूण ह्या शेपडेची मदत घेता. हांकां जमनीर चलपाक सारकें जमना. पिलांखातीर मादी झाडाचेर व्हडले घोंटेर बांदतात. हातूंत पिलां आनी मादीय रावता. नर स्वताखातीर एक वेगळे अशें घर बांदतात.

५) शेतांतले उंदीर आनी कोळुंदीर : म्युरिनी, क्रायसेटिनी आनी जिब्रॅलिनी ह्या उपकुळांतली बँडिकोटा बेन्गॉलेन्सिस, ग्रे आनी हार्डव, रेटस नॉर्व्हेजिकस, बर्केनहोर्ट आनी रॅटस. रॅटसच्या तीन उपप्रजातिंचे कोळुंदीर, तेचप्रमाण बँडिकोटा इंडिका, बक्सटिन, जेब्रीलस ग्लाडोवी, मरे, मस बूडुगा, (ग्रे), आनी टॅटेरा इंडिका इंडिका, (हाडर्व) ह्या प्रजातींचे उंदीर पिकांचे खुबूच लुकसाण करतात.

हें उंदीर जमनीवयले आनी जमनी पोंदचे ऊशीकांडे पोखरतात, माडांचेर चडून नाल्ल्ल पोखरता. हो प्राणी सर्वभक्षी. खावपापरस नासाडी चड करता. हो चड चपळ आसून उब्या वणटिंचेर आनी माडांचेर चडपाक शकतात. ताका पेंवपाकय येता. हे उंदीर दिसा उजवाडाक बिळांत लिपून रावतात आनी रातचेवेळार आपले उद्योग करतात. ते एकामेकांचेर चडून शेतांतली कणसांय हुमटायतात. कोळुंदीर

हो कृतंक वर्गातलो आसलो तरी उंदरापरस २ ते ४ पटिंनी व्हड. हांकां इंग्लिशींत 'रॅट' अशें म्हणटात. हो उंदरापरस बुद्धीन कमी पूण चड धीट. तांकां उदकाचो आसरो जाय आसता म्हणून रेबो वा गटारां भोंवतणीच आसतात. हाची बिळां बरींच व्हड आसता. ह्या बिळांनी चोरवाटो आनी रावपाखातीर कुडी आसतात. तांकां वत सोंसना. हांच्योय कांय जाती आसता.

१) गांवठी २) झुडुपी ३) ढिगारी ४) बंदरी ५) बांबू (कोंडो) ६) मेताद ७) रान

१) गांवठी कोल्लुंदीर : इंग्लिशींत हांका कॉमन हाऊस रॅट अशें म्हणटात. तर रॅटस अशें लॅटिनांत म्हणटात. हांच्या आंगाची आनी शेपडेची लांबाय मेळून १५ सें. मी. हे उंदीर वेगवेगळ्या रंगान पळोवंक मेळटा. त्यांचे पोट फाटीपरस, धवें आसता. तर कांय जाणांचे पोट एकदम धवेंच आसता.

२) झिली कोल्लुंदीर : 'बुश रॅट' अशें इंग्लिशितल्यान म्हणटात. 'गोलुंद ईलियट' हें नांव लॅटिनांतलें घोळटा कोल्लुंदराच्या आंगाची आनी शेपडेची लांबाय १० से. मी. हे उंदीर झिल्लिंनी आसरो घेतात. झाडाच्या खांदयेर वा झाडापोंदा, जमनिवयलीं पानां आनी काडयों वापरून घोंटेर बांदतात.

३) ढिगारी कोल्लुंदीर : हे कोल्लुंदीर आपल्या बिळाकुशीक मातयेचो ढीग एकठांय करून दवरता. आनी म्हणून ताका ढिगारी कोल्लुंदीर अशें म्हणटात. मोल रॅट अशें इंग्लिशींत म्हणटात. तर बॅंडिकोटा गेलबारिका अशें लॅटिनांत म्हणटात. हो कोल्लुंदीर हेर कोल्लुंदरांपरस व्हड. हाची लांबाय २० ते २२ सें. मी. पूण ताची शेपडी मोटवी आसता. दाट केंस आनी ताचो फाटिचो भाग काळो. हाची बिळां खूप ल्हान आसता. पूण काय बिळां २० ते ४० मीटर लांबायेचीय सापडल्यात. ह्या बिळांनी तो आपलो खाणांचो पुरूमेत एकठांय करून दवरतात

४) बंदरी कोल्लुंदीर : मराठींत हाका पिंगला कोल्लुंदीर अशें म्हणटात. ब्राऊन रॅट अशें इंग्लिशींत तर रॅटस नॉर्वेजिकस अशें लॅटिनांत म्हणटात. हो गांवठी कोल्लुंदरापरस व्हडलो सुमार २० सें. मी. लांबायेन पूण ताची शेपडी आखूड. चडकरून उदक आशिल्ले सुवातिंनी हो उंदीर पळोवंक मेळटा.

राजस्थानातल्या करणीमाता देवळांत उदरांक खाण घालताना.

५) बांबू (कोंडो) कोल्लुंदीर : हे उंदीर चडकरून कोंड्याच्या रानांनी सापडटात. तांचे दोन प्रकार आसात १) ल्हान कोंडो कोल्लुंदीर आनी २) व्हड कोंडो कोल्लुंदीर

१) ल्हान कोंडो कोळुंदीर – इंग्लिशींत तांकां बे बांबू रॅट अशें म्हणटात. तर कॅनोमिस बेडिअस अशें लॅटिनांत म्हणटात. हे उंदीर ऱ्हीझोमिडी कुळांतले. तांची लांबाय २० सें.मी. पूण तांची शेपडी आखूड. तांचो रंग तांबूस – पिंगसो आकारान ते जाडजूड. तांची बिळां लांब आसता. हेर उंदरापरस हे बुद्धीन हुशार आनी आंगा–पांगान घट. तांचे फाटीक लागल्यार ते फूस... करतात.

२) व्हड कोंडो कोळुंदीर – होरी बांबू रॅट अशें इंग्लिशींत म्हणटात. ऱ्हीझोमिस प्रुइनोसस अशें लॅटिनांत म्हणटात. ह्या उंदराची लांबाय ३५ सेंमी. आनी रंग गाड – तांबडो हे उंदीर पळोवपाक भयानक दिसता.

६) मेताद : सॉफ्ट कर्ड फील्ट रॅट अशें इंग्लिशींत म्हणटात. गिलार्डिया मेल्ताद अशें लॅटिनांतल्यान म्हणटात. कोळुंदीर आकारान ल्हान. ताची आनी शेपडेची लांबाय १३ सें. मी. तांचे केंस मोव आनी कान वाटकुळे आसतात. हे उंदीर शेतांची वाट लावन उडयतात.

७) रान कोळुंदीर : व्हाइट टेल्ड बुड रॅट अशें इंग्लिशींत घोळटा. तर मिलार्डिया मेल्ताद अशें लॅटिनांत घोळटा. हें उंदीर आकारान ल्हान. तांची लांबाय आनी शेपडेची लांबाय १५ सें. मी. आसता. झाडाचेर वा खडपांच्या कोनशांनी ते आपले बिळां करतात. तशें पळोवंक गेल्यार उंदीर आनी कोळुंदीर हेर सुवातिनी तशेंच गोंयांतय पळोवंक मेळटात. गांवठी उंदीर घरांनी तर गांवठी कोळुंदीर घराभोंवतणी पळोवंक मेळटा. उंदीर आनी कोळुंदीर पिकांचे तशेंच कडधान्याचे खुबूच लुकसान करतात. अशें तरेन लुकसाण जावचें न्हय म्हूण उंदरांक मारपाखातीर बेरियम कार्बोनेट, झिंक फॉस्फॉईड, व्हाइट आर्सेनीक, थॅलियम सल्फेट, डायकार बॉक्सिमाइड, एन्ड्रिन आनी वारफॉरिन आनी रॅट किलर सारक्या घातकी विखारी कांपांचो उपेग करतात. उंदरांक जिते धरपाक सांपळो (लातेर, पिंजरो) वापरता. हो पिंजरो म्हळ्यार लाकडी कास आसता आनी तिच्या तोंडाचेर चापाचें दार बसयता. ह्या चापाक जोडिल्ल्या हुकांच्या काशिंतल्या तोंकाक खारें नुस्तें, कातले कुडको वा हेर तरेचे खाण बांदता. हें खाण खावपाक जेन्ना उंदीर सापळ्यांत सरता तेन्ना हुकाक धक्को बशिल्ल्यान दाराचे चाप सुट्टा आनी धप्प करून दार तोंडार बसता. दाराचे धांवप उक्तें जावप स्प्रिंगीर आशिल्ल्या कारणान तें भितल्यान उक्तें करप उंदराक कुस्तार वता आनी तो भितर अडकून पडटा. दोन कात्र्याचो लोखंडी लातेरुय उंदराक धरपाक वापरता. ह्या लातेराच्या दोनीय कात्र्यांचे धापप उक्तें जावप चापाचेर आसता. कात्र्यांमदीं खावपाचे जिन्नस दवरपाखातीर एक पाती आसता ते पातिचेर चाप सुटपाचे, धरपाचे थारायता. उंदीर जेन्ना खाण खावपाक पातिचेर चडटा तेन्ना कात्र्यांचे चाप सुटून दोनी कात्रें एकठांय येतना तांचेमदीं उंदीर चिड्डता. उंदीर पिकांचे तशेंच कडधान्यांचेय


उंदीर वाहनाचेर बशिल्लो गणपती

वाट लायतात, खरे, हे खातीर तांकां मारपाक कांय विखारी वखदांचोय वापर करतात. पूण ह्या उंदरांक हिंदू धर्मांत एक खाशेलें अशें म्हत्व दिलां. उंदराक गणपतीचें वाहन अशें मानलां. उंदरापरस गणपती आंगान मोठो (लठ्ठ). पूण तरीलेगीत उंदीर गणपतीक आपल्या फाटीर बसोवन सगळ्या भोंवडी करतालो. इतलेंच न्हय तर चवथी दिसा गणपती बरोबर उंदराकूय निवेद्यांचे पान (जेवणाचे पान) दाखयता.

चवथीक पुजेक लायता ते गणपतीचे मुर्तीलागीं उंदराचीय ल्हानशीं मुर्ती आसता. तिका उदुल्ली म्हणटात. उंदराक मारल्यार गणपतीक राग येता अशी म्हणय प्रचारांत आसा.

राजस्तानात करणीमाता मंदिरांत उंदरांचो भोवमान करून पुजारी तांका दिसपट्टें देवामुखार खाण घालता. तेन्ना देवळांत जायते उंदीर येवन ताटांतलें खाण खातात.

– सं. मं.

उसगांवकर, वर्षा : (जल्म : पणजी, गोंय)

गोंयची नामनेची अभिनेत्री. तिचें मूळ घर गोंयच्या दिवचल तालुक्यांतल्या उसगांव गांवांत आसा. तिच्या बापायचे नांव अच्यूत आनी आवयचे नांव माणिक. अच्यूत उसगांवकार हो राजकारणी आशिल्लो आनी तो बरोच काळ गोंय राज्यांत मंत्री आशिल्लो. तिणें वाणिज्य शाखेंत पदवी घेतल्या. सुरवेक तिणें पणजेच्या कला शुक्लेंदु संस्थेच्या नाटकांत काम केलें. गोंयच्या कला अकादेमी आयोजीत नाटक सर्तींत तशेंच महाराष्ट्र राज्य नाटक सर्तींत तिणें एक कलाकार म्हणून बरें नांव जोडलें. १९८२ वर्सा मुंबय जाल्ल्या महाराष्ट्र राज्य नाट्य सर्तींत, 'महापूर' नाटकांतले भुमिकेखातीर तिका भांगरा पदक मेळ्ळें. उपरांत तिणें औरंगाबाद हांगाच्या नाट्य शिक्षण संस्थेंत नाटकाचे रितसर शिक्षण घेतलें. ते उपरांत वर्षाक वेवसायीक रंगमाचयेचें आमंत्रण मेळ्ळें. तामु केंकरे हाचें ''कार्टी प्रेमात पढली'' हें तिचें पयलें व्यवसायीक नाटक. ह्या नाटका फाटल्यान सुधीर भट हाच्या 'ब्रह्मचारी' नाटकांत तिणें काम केलें. वर्षाचे रंगमाचयेवयलें कलात्मक काम पळोवन तिका मराठी चित्रपटांत चित्रपट, निर्मात्यानीं संद दिली. सचिनच्या 'गंमत जंमत' चित्रपटांत तिचें पयलें भुमिकेखातीर तिका उत्कृष्ट अभिनेत्रिचो पुरस्कार तिका लाबलो. 'हमाल दे दमाल,' 'पसंत आहे मुलगी,' 'एक होता विदुशक', 'आत्मविश्वास,'

'लपंडाव', 'सवत माझी लाडकी,' 'नवरी मिळे नवऱ्याला,' 'धुमाकुळ', 'गडबड घोटाळा' हें तिचे गाजिल्ले चित्रपट आसात. मराठी चित्रपटा उपरांत तिणें हिंदी चित्रपटसृष्टींत पदार्पण केलें. १९९० प्रदर्शीत जाल्लो 'दूध का कर्ज' हो तिचो पयलो हिंदी सिनेमा. 'शिकारी' (१९९१), 'साथी' (१९९१),

'हफ्ता बंद' (१९९१), 'आफ्लातून' (१९९१), 'तिरंगा' (१९९२), 'हनिमून (१९९२), 'दिलवाले कभी ना हारे' (१९९२), 'परवाने (१९९३), 'खलनायिका' (१९९३), 'इन्सानियत की देवता' (१९९३), 'घर आया मेरा परदेसी' (१९९३), 'पथरेला रिश्ता' (१९९४), 'शोहरत' (१९९६), 'मकादम' (१९९६), 'हँसते हँसाते' (१९९८), 'चहरा' (१९९९), 'स्टायल' (२००१), 'हत्याः द मर्डरर' (२००४), 'द रायसिंग : ब्लड ऑफ मंगल पांडे' (२००५), 'जिग्यासा' (२००६), आनी 'नाम' (२०१०) हे तिचे मुखेल अशे हिंदी सिनेमा आसात. तिणें नामनेच्या अभिनेत्यावांगडा भुमिका करून आपले आंगांतले कसब दाखयलां. 'घर आया परदेसी' चित्रपटांत गोविंदा वांगडा 'हफ्ता बंद' आनी 'दूध का कर्ज' चित्रपटांत जॅकी श्रॉफ वांगडा, 'छैल छबेला' चित्रपटांत चंकी पांडे वांगडा, 'शिकारी' चित्रपटांत मिथून चक्रवर्ती आनी नसिरुद्दीन शहा वांगडा आनी 'हनीमून' चित्रपटांत ऋषी कपूरावांगडा तिणें काम केलां.

नाटक आनी चित्रपटावांगडाच टि. व्ही. माळेंतूय तिणें दोळ्यांत भरपासारकें अभिनय दर्शन केलां. हेमा मालिनीन निर्माण केल्ले आनी रवी चोप्रा हाणें दिग्दर्शीत केल्ले 'झाँसी की राणी' हे दूरदर्शन माळयेंतली झाँसीच्या राणयेची भुमिका आनी बी. आर. चोप्रान निर्माण केल्ले महाभारतांतली 'उत्तरेची' भुमिका, ह्यो दोनय भुमिका गाजोवन वर्षान ल्हान पड्ड्यावयल्यान व्हड नामना जोडलीं. तेचवांगडा वेगवेगळ्या जायरातीखातीरय वर्षान काम केलां. वर्षाक गायनाचें आवड तशेंच आंग आशिल्ल्यान ताणें ऑरकेस्ट्रानीं पदां म्हळ्यात.

तिच्यो गितांच्यो कॅसेटी तशेच आल्बमूय आयल्यात. १९९० ते २००० ह्या दसकांत वर्षान आपल्या कलात्मक अभिनयावरवीं मराठी तशेंच हिंदी चित्रपटसृष्टींत आपलें खाशेलें योगदान दिलां. तिचें हें योगदान सातत्यान फुडेंय चालू आसा.

– सं. मं.

उजवात : जळटाना वास दिवपी काडी. कोंड्याचे बारीक काडये भोंवतणी वासाचो पिठो दसोवन उजवाती करतात. लाकडाचो पिठो (भुसो) वासाच्या तेलांत कालोवन तें कालवणें काड्यांचेर सारोवन सुकयता. तेखातीर, उजवातीच्या आकाराप्रमाण वेगवेगळे सांचे आसता. उजवात उबी धरपाखातीर काडयेचें एक तोंक कसल्यातरी बुरखांत खोंवचे पडटा. म्हणून एका तोंकार लेप लायनासतान थोडी सुवात मेकळी दवरची लागता. आदल्या तेंपार उजवातिचें उक्तें तोंक केळिच्या गब्यांत, तांदूळ वा हेर धान्याचे राशींत खोंवप जाताले. आता उजवातीखातीरच म्हणून तयार केल्ले. बुरखां – बुरखांचे धातुचें स्टँड बाजारांत उपलब्ध आसात.

सर्वसाधारणपणान उजवाती ह्यो काड्यांच्यो



उजवाती आसता. पूण सुती दोऱ्यांक सुवासीक कालवण दसोवन दोऱ्याच्यो उजवाती तयार करता. काडी वा दोरो वापरिनासताना निखतो सुवासीक कालवणाचे कुडके तयार करता. चाफें, मोंगरे, चंदन, गुलाब अशा फुलांच्या वासांचो अविश्कार घडोवपी वेगवेगळ्या वासांच्यो उजवाती तयार करतात. उजवात पेटयली म्हणटकीर तिच्या उज्यांत सुवासीक लेप पेट घेता आनी तातुंतल्यान योवपी सुवासीक धुंगर वातावरणांत वास पातळटा.



उजवाती तयार करताना.

उजवातीचो वापर मुखेलपणान देवपुजेखातीर जाता. देवाक गंध, फूल करून जातकीर उजवात दाखयता. धुपारती असो एक आरतीचो प्रकार आसा. हातूंत धूप हें सुवासीक द्रव्य एका आयदणांक (धुपारणें) घांतिल्ल्या जळट्या निखाऱ्याचेर दवरल्या उप्रांत, तातुंतल्यान सुवासीक धुंगर भायर सरता. ह्या सुवासीक धुंगराची आरत देवाक दाखयता. धुपारती तयार करपाचें काम थोडें किचकटिचें जाल्ल्यान, तिचे सुवातेर उजवातीच्या सुटसुटीतपणाखातीर उजवाती दाखोवप आयलां आसूं येता. देवपुजे फाटोफाट उजवातिचो वापर मनशाचो मर्ण क्रियेवेळार जाता. मेल्ल्या मनशाची कूड सरणार दवरून पेटयताना, जमिल्ले लोक उजवाती, चंदनाचे कुडके, तुळशिच्यो काड्यो सरणार दवरता. मर्णाक वतनां उजवाती पुडो व्हरपाची प्रथा कोंकणांत आसा.

उजवातीक जसो धार्मीक संदर्भ आसा तसो तिका पर्यावरणीय संदर्भय आसा. वातावरणांत वास पातळून वातावरण शुद्धी आनी प्रसन्नताय हाडपाचो उजवाती फाटलो उद्देश दिसता.

आदल्या काळांत पतंग वाऱ्यार सोडपाच्या खेळांत उजवातीचो वापर करताले. पतंग वयर मळबांत पावलो म्हणटकीर ताका दोऱ्यापासून अलग करून वाऱ्यार मेकळो सोडटाले. मागीर ताचें दोऱ्याविणे वाऱ्यार हुबप पळोवप एक आगळो आनंद आसतालो. असो पतंग सोडचे पयलीं, ताका बांदिल्ल्या दोऱ्याच्या तोंकाकडेन एक पेट्टी उजवात बांदताले. जसो जसो पतंग वयर सरता, तशी तशी उजवात पेटत पेटत दोऱ्याकडेन पावताली. उप्रांत उजवातीचो दोरो लासून तो तुट्टालो आनी पतंग अलग जातालो आनी हवेंत तरंगत रावतालो. तुटिल्लो दोरो कवळून घेवन ताचो वापर दुसऱ्या पतंगाखातीर करप जातालो

– **सं. मं.**

उजोवणी : एक धार्मीक विधी. ह्या विधीक दोन संदर्भ लागता. एक संदर्भ उक्तावणाचो. दुसरो संदर्भ समारोपाचो.

घर, तुळस, बांय सारख्यो बांदावळी, थेट वापरांत ना हाडपाची रीत आसा. तिचो वापर सुरू करचेपयलीं, तिचेर धार्मीक संस्कार करचे आसता. ह्यो बांदावळी

बांदून जातकीर, ते ते बांदावळी खातीर थारायल्लो धार्मीक विधी केल्याउप्रांतच तिचो वापर करतात. अशें केल्ल्यान ह्या बांदावळींचें बांदकाम चलतांना, जर खंय कसलो अशुभाचो तिचेकडेन संपर्क आयला, वा भश्ट्याची बाधा जाल्या आसत तर, धार्मीक विधी करून तिका शुद्ध करून घेवपाची रीत आसा. तशेंच फुडाराक ह्या बांदावळीचेर धार्मीक विधी वरवीं, देवाचें अधिष्ठान बसयलें की ह्यो बांदावळी फुडाराक जैताक पावतल्यो असो भावार्थ आसता.

सगळ्यांच धर्मांनी घर बांदलें म्हणटकीर धार्मीक विधी केल्याउप्रांतच घरप्रवेश करता. ताका वास्तुशांती म्हणटात. तशेंच बांय वा तुळस बांदून जातकीर, धार्मीक विधी करून तांच्या वापराक सुरवात करता. तेन्ना बांय उजयली वा तुळस उजयली म्हणटात.

कांय धार्मीक व्रतां हीं कांय काळापुरतींच करपाचीं आसता. अमूकच फावट तीं केल्याउप्रांत तीं व्रतां सोडप जाता. अशा व्रतांनी, सोडचे पयलीं निमाण्या व्रता दिसा त्या व्रतांचे मालिकेची सांगता करता. ह्या सांगता – विधीक व्रत उजयलें म्हणटा. व्रत उजयलेउप्रांत तें करपाचें बंधन उरना.

अशीं व्रतां हीं चडशीं आंगवणेची व्रतां आसता. आंगवणेप्रमाण तांचो आंकडो थारता. थारायल्लो आकडो सोंपतकीर ती व्रतां उजोवन तांची सांगता करता.

केन्ना केन्ना, भलायकेच्या कारणाक लागून वा आनी खंयचे अडचणीक लागून आंगयल्ल्या व्रतांचो पुराय आंकडो पुरो करपाची शक्यताय नासता, तेन्नाय तें व्रत थांबोवचेपयलीं ताका उजोवचें लागता.

– सं. मं.

उटणें : न्हावपाखातीर वापरप जाता तो वासाचो पिठो वा वासाचों वटणे (पेस्ट). सुगंधीआनी वैजकी गूण आशिल्लीं द्रव्यां घालून केल्ल्या पिठ्यांत वा वटण्यांत त्या सुगंधी द्रव्यांचो सुगंध तसो वैजकी गूण अस्पावता. अशीं उटणीं लावन न्हाण घेतलें म्हणटकीर तें न्हाण सुगंधीत जाता. तशेंच तातुंतल्या वैजकी घटकाचो न्हातल्याचे कातीक बरो परिणाम मेळटा. ह्या दोट्टी फायद्यांक लागून आदल्या काळांत, दिसपट्ट्या न्हाणांत वेगवेगळ्या उटण्यांचो वापर जातालो. उटणें लावन न्हावप हो काती खातीर एक तरेची थेरपी आसताली.

हालिंच्या काळांत जायत्या तरांचे वासाचे शाबू आनी तेलां उपलब्ध जाल्ल्यान, उटणें वापरप उणें जालां. फकत दिवाळेचे परबे दिसा न्हाण घेताना उटणें लावन न्हावपाचे भोगावळीपुरतो उटण्याचो वापर उरला.

– सं. मं.

उठा–बशी : उठप–बसपाचे सातत्यान केल्ले क्रियेक उठा–बशी काडप म्हणटा. उठप (उबो रावप), बसप (पांय धोंपरांत मोडून), अशें कांय वेळ एकसारके करपाची ही क्रिया. हे क्रियेफाटले दोन उद्देश दिसतात. एक कुडीक व्यायाम दिवपाचो एक फाटो फाट उठ–बसपाचे क्रियेंतल्यान मनशाचे कुडीची हालचाल जावन तिका, विशेश करून तिच्या धोंपरांक, कंबराक, पोंवट्यांक, पावलांक व्यायाम घडटा. दुसरो उद्देश आसलो तो ख्यास्त दिवपाचो. आदल्या तेंपार, शाळेंत वा घरांत भुरग्याकडसून कसली चूक घडली (अभ्यास केलोना, वेळार शाळेंत, घरांत आयलोना, मस्तेंपण केलें) तर त्या

भुरग्याक उठा-बशी काडपाची ख्यास्त फर्मावप जातालें. चुकीचें खरसाणीप्रमाण उठाबशींचे संखेचें प्रमाण थारतालें. उठा बशीची पिडा चड त्रासदायक जावंची म्हणून उठा-बशी काडटल्याक आपले कान धरून उठाबशी काडपाक सांगताले. उजव्या हातान दावो आनी दाव्या हातान उजवो कान धरून उठाबशी काडपाची रीत आसताली. उठाबशीचे ख्यास्ती फाटल्यान ख्यास्त आनी व्यायाम असो दोट्टी उद्देश दिसता. आदल्या तेंपार सर्रास चलणुकेंत आशिल्ल्यो उठा-बशीची ख्यास्त नव्या शिक्षण-शास्त्रांत आनी कुटुंब-शास्त्रांत अमानवी जाल्ल्यान बेकायेदशीर जाल्यात. आतां त्यो फकत व्यायाम प्रकारांतच पळोवंक मेळटात. तरीय 'कोणाच्यो म्हशी आनी कोण काडटा उठा-बशी' हे म्हणीच्या रुपांत हे क्रियेचो उल्लेख साहित्यांत घोळटा.

– सं. मं.

उडगिरें : पळयात : केळवण.

उडीद : (मराठी – हुडीद, हिंदी – उडद, ठिकिरी, गुजराती – अडेद, कन्नड – उडदू, संस्कृत – माष पितृभोजन, इंग्लिश – ब्लॅक ग्रॅम, लॅटिन – फॅसिओलस मुंगो, कुळ – लॅग्युमिनोजी, उपकुळ – पॅपिलिऑनेटी).

उश्ण कटिबंध भागांत सांगो येवपी ही वाल सुमार एक वर्स जगता. तिच्या खोडाक बारीक ल्हंव आसून ताच्यो कितल्योश्योच खांद्यो आसता. ताची पानां मेकळी, त्रिदली आनी एकाआड एक अशी, रुंद, पातळ, तोकदार आसता. तशेंच ताची फुलां ल्हान, हळडुवीं आनी पांच-स पाकळ्यांचो चोंबो कसो आसतात. फुलां पतंगाच्या भशेन (अगस्ता, लॅग्युमिनोजी) आसता. तशेंच ताच्यो सांगो गोल आनी लांब आसून तातूंत १०-१५ काळपट बियों आसतात.

भारतांत मध्य प्रदेश, उत्तर प्रदेश, पंजाब, महाराष्ट्र, पश्चिम बंगाल, आंध्र प्रदेश आनी कर्नाटक ह्या राज्यांत उडदाचें पीक चड प्रमाणांत पिकयतात. तेभायर इराण, मलाया, पूर्व आफ्रिका, ग्रीस ह्या प्रदेशांतय ताची लागवड जाता.

लागवड : जून – जुलै म्हयन्यांत ह्या पिकाची पेरणी सुरू करतात. ८५ ते ९० दिवसांनी ताचे पीक तयार जाता. ह्या पिकाक काळी आनी घट्ट अशी जमीन लागता. उश्ण प्रदेशांत जशें पीक काडटात तशेंच दर्यादिगेरय १,८०० मी. उंचायेर थंड प्रदेशांत तें येवंक शकता. दोंगराळ भागांत आनी दमट वातावरणाच्या भागांत उडीद बरो पिकता.

उडीद पिकोवपी जमीन पयली नांगरयतात आनी सपाट करतात. बीं घालतगीर जमीन सपाट करचे खातीर फळी फिरयतात. सांगो पिकून काळ्यो दिसल्यो म्हणटगीर त्यो खळार व्हरून सुकयतात. मागीर सुकतगीर बडयेन बडोवन ना जाल्ल्या बैलाची मळणी घालतात. आनी उडीद वेगळे काडून साठोवन दवरतात.

उत्पन्न :– सरासरी प्रति हेक्टर उत्पन्न ५०० ते ७५० किग्रँ दाणे (उडीद) आनी १,५०० ते १,६०० किग्रँ तण (भुसो) तें गोरवांक घालता.

रोग : ह्या पिकाक भुरी आनी तांबेरां रोगापासून बाधा जाताजाल्ल्यान ह्या रोगाक प्रतिबंध करपी जातीचें बी वापरतात.

उडिदाच्या दाळिच्या पिठापासून पापड, वड्यो

करतात. तशेंच पोळे, डोसा इडली सारकिल्या पदार्थांक फूग तशी रूच हाडपाखातीर उडिदाच्या दाळीचो वापर करता. उड्डामेथी (बांगडे, आंबाडे आदी) खाणांत उडिदाचो वापर जाता. कांयजाण वरणाखातीरय उडिदाची दाळ वापरतात. उडिदांत 'अ', 'ब' आनी 'क' जीवनसत्त्वां आशिल्ल्यान तें मनशाचें तशें मोनजातीचें पौश्टीक खाण आसा. शिजयल्ली दाळ आवयक दूद जावंक मजत करता. तशेंच उडीद हो शक्तवर्धक जाल्ल्यान, मनशाची विशेश करून दादल्याची दुर्बळकाय पयस करता.

कर्नाटकांत, कोंकणी समाजांत लग्नावेळार जो दांते लावपाचो विधी. म्हणजे व्हंकलेक (व्हंकलेघरा), न्हवऱ्याक (न्हवऱ्या घरा) घेवंन, पांच सवायशिणी दांत्यार दळतात, तेन्ना दात्यांत उडीद घालून दळतात. हे विधीक 'उड्डा म्हुर्त' म्हणटात.

– सं. मं.

उडुपी : कर्नाटक राज्यांतल्या दक्षीण कन्नड जिल्ल्यांतलें एक नामनेचें तीर्थक्षेत्र. उडुपी जिल्ल्याची स्थापना, ऑगस्ट १९९७ त, दक्षीण कन्नड जिल्ल्याचे उत्तरेकडेन उडुपी, कुंदापूर आनी कारकल अशे तीन तालुके वेगळे करून केल्ली. ह्या जिल्ल्याचें वट्ट क्षेत्रफळ ३५९८ चौ. मी. आसून ताचे उत्तरेक उत्तर कन्नड जिल्लो पुर्वेक शिमोगा आनी दक्षीणेक दक्षीण कन्नड जिल्लो आसा.

उडुपी, उडपी, उडिपी वा उडुपपूर अशा नांवान वळखतल्या ह्या थळाचें आदलें नांव 'उडुपा' अशें आसलें. 'उडू' म्हटल्यार 'नखेत्र' आनी 'पा' म्हटल्यार 'पालक'. ह्या संदर्भांत 'उडुपा' म्हटल्यार 'चंद्र' अशें जाता. शापीत चंद्रान हांगा तपश्चर्या करून शंकराक प्रसन्न करून घेतकर, शंकरान ताका आपल्या माथ्यार घेतलो अशी दंत-कथा आसा. तेभायर 'ब्रह्मपुरी', शिवळ्ळी', 'रजतपीठपूर', 'रौप्यपीठ' ह्या नांवानी आदल्या काळांत ह्या स्थळाक वळखताले. धार्मीक आनी अध्यात्मीक परंपरेचें केंद्र आशिल्ल्या ह्या वाठारांत सुमार ५० देवस्थानां, १२ इगर्जो, १० मशिदी, आनी १ जैन स्मारक आसा. हांगा शैव, शाक्त, सौर, गाणपत्य, स्कांद, भागवत अशा वेगवेगळ्या संप्रदायांची परंपरा चलताली म्हणपाचें हांगच्या धर्मस्थळावयल्यान समजता. ७-८ शतमानांतलीं चंद्रमौळीश्वर, अनंतेश्वर, पेरंपळ्ळीमहालिंगेश्वर, ६-७ शतमानांतलें कडियाळी महिष-मर्दिनी, पेरंपळ्ळी-मल्लपळ्ळीं जनार्द (श्री विष्णु), कन्नरपाडी, बैलूर आनी अंबागिल पुत्तूर दुर्गा-महिषमर्दिनी हीं देवालयां वेगवेगळ्या सांप्रदायाचें दर्शन घडयता. तेराव्या शेंकड्यांतलो द्वैतमताचो पुरस्कर्तो मध्वाचार्य (१२३८-१३१८) हाची ही जल्मभूंय आनी कर्मभूंय. ताणें आपल्या धार्मीक आनी आध्यात्मीक तत्त्वगिन्यानाचो बुनयादी वावर करूंक हांगां श्रीकृष्णाचें देवूळ आनी अष्ठमठांची (आठ मठांची) थापणूक करून उडुपी हें द्वैतमताचें केंद्रस्थान केलें. फलिमार, अदमार, कृष्णापूर, पुत्तिगे, शिरूर, सौदे, काणियूर आनी मेजावर अशा आठ थळांतल्या आठ मठांनीं मध्वमतानुयायींची नेमणूक करून धार्मीक कार्याक प्रेरणा दिली. ह्या अष्ठमठांतले स्वामी दर दोन वर्सांनी, एका फाटल्यान एक अशे रितीन, उडिपीच्या देवस्थानांतल्या देव पुजेचें आनी धार्मीक – सांस्कृतीक कार्याचें फुडारपण चलयता. ह्या दोन वर्सुकी अधिकारण सुवाळ्याक 'पर्यायम' (पर्यायी वेवस्था) अशें म्हणटात. ह्या वेळार जावपी व्हड सुवाळ्याक 'पर्यायम्' वा 'पर्यायी' उत्सव



श्रीकृष्ण मंदिर

म्हणटात. ह्या उत्सवाक सबंध कर्नाटकांतल्यान लोक येवन ह्या उत्सवांत सहभागी जाता. मकरसक्रांती आदीं धा दीस जावपी श्रीकृष्ण मंदिराचो उत्सव आनी तेवेळार जावपी रथोत्सव हेंय लोकांखातीर एक व्हड आकर्शण आसता.

२००१ जनगणनेप्रमाण उडुपी जिल्ल्याची लोकसंख्या ११,१२२४३ आसली. हातूंत ५,२२,२३१ दादले आनी ५९००१२ बायलो आसल्यो. अनुसुचीत जातीची लोकसंख्या ६७६८९ तर अनुसुचीत जमातीची ४१६१३ आसली. हांगा ९२० प्राथमीक शाळा, २०१ माध्यमीक शाळा, ७३ ज्युनियर आनी २८ सिनीयर कॉलेजी, २ पोलिटेक्नीकां, २ कायदो महाविद्यालयां, ४ अभियांत्रिकी आनी २ वैजकी महाविद्यालयां आनी एक शिक्षण – महाविद्यालय आसात. ते भायर ल्हान ल्हान अभ्यासक्रमाचीं जायतीं वेवसायीक शिक्षण केंद्रां आसात.

उडुपी जिल्ल्याचो शेती हो पारंपारीक वेवसायाचें आजय जिल्ल्याच्या आर्थीक उदरगतीक योगदान मेळटा. भात, ऊंस, नाल्ल, सुपारी, काजू, आंबे, केळीं, अनसां, कोको, उडीद, मूग, चणे, भिकणां आनी सासवां रबर हांचो शेती–पिकांत आस्पाव



दिपस्तंभ

जाता. ताचेच जोडयो तवशीं, कणगां, वांयगीं, मिरीं, सांसवां, आलें सारकिलीं पोरसांतलीं पिकांय हांगा काडटात. सुमार १२,२२,१३२ हेक्टर जमीन वेगवेगळ्या लागवडी खाला आसा. हांचेच जोडयेक दूद निर्मिती नुस्तेमारी हेय वेवसाय हांगा चलता.

उडुपी जिल्ल्यांत म्हणपासारके दूद निर्मिती, नुस्तेमारी हेय वेवसाय हांगा चलता.

उडुपी जिल्ल्यांत म्हणपासारके व्हड प्रमाणांतलें उद्योगीकरण जाल्लें नासलें तरी लघुउद्येग व्हड प्रमाणांत चलता. उद्योगीकरणाच्यो व्हड येवजणी फुडाराक योवपाचो शक्यताय आसा.

उडुपी जिल्ल्याची वळख मणिपाल उद्योग आनी ताचो निर्मातो डॉ. टी. एम्. ए. पै हांचो उल्लेख केलेबगर सोंपची ना. विशेश करून बँकींग, वैजकी, अभियांत्रिकी आनी वेवस्थापन शास्त्र ह्या शिक्षणीक उद्योगीक-वाणिज्य मळांचेर तांणी केल्ले क्रांतिकारी वावरान ह्या जिल्ल्याक एक नामना प्राप्त जाल्या. श्रीक्षेत्र धर्मस्थळ ह्या धार्मीक पिठाचेवतीन जावपी धार्मीक आनी तितकीच शिक्षणीक तशी उद्योगीक प्रगतीय ह्या जिल्ल्याच्या विकासाक हातभार लायता. मणिपाल उद्योगा वांगडाच उडुपीचें नांव खाणावळ उद्योगांत (हॉटेलींग) भारतभर जाला. हांगच्या कोंकणी लोकांचे ह्या वेवसायांतले कुशलतायेक लागून तांच्या खाणावळींक उडुपी हॉटेलां म्हणुनच लोक वळखतात.

उडुपी शाराभायर, उडुपी जिल्ल्यांतलीं सेंट मेरी द्वीप हडेबेंग्रे, बारकूट, मणिपाल, कापुद्वीपस्तंभ, मुडबिदरे, धर्मस्थळ, सुब्रम्हण्यम्, गोकर्ण, श्रृंगेरी, हीं

इतिहासीक, धार्मीक आनी पर्यटनीय थळां आसात.

– सं. मं.

– डॉ. जयवंत नायक

– सिद्धापुर वासुदेव भट

उत्तप्पा : साहित्य : १ वाटी उड्डांची दाळ, २ वाटी रवो, १/२ इंच आलें (चिरिल्लें), २ कांदे, तेल, २ चमचे ओली कोथमीर (चिरिल्ली), १ व्हडलें तोमात ३–४ हरवी मिरसांगो, रूचीपुरतें मीठ

रित : उड्डांची दाळ वेंचून ती धुवन आदल्या राती भिजत घालची. दुसऱ्या दिसा सकाळीं मिक्सराचेर ती बरी वांटची. एका आयदनांत तेल घालिनासताना रवो बरो भाजचो. कमीच कमी मंद उज्यार धा मिनटां रवो भाजून घेवचो. रवो भाजल्या उपरांत वांटिल्ल्या उड्डांच्या दाळींत तो घालचो. रूचीपुरतें मीठ घालचें आनी बरें दाटशें पीठ करपाखातीर जाय तितलेंच उदक घालून पीठ बरें चाळचें. तोमात, कांदे, हरव्यो मिरसांगो, आलें, ओली कोथमीर चिरून ह्या पिठांत घालून परतून चाळचें.

तव्यार तेल घालून तवो तापत दवरचो. तेल तापतकच दवल्यान पीठ मात्शे चाळचे आनी तव्यार घालचें. हाचेर दवल्यान फेरो मारिनासताना धांपणें धांपचें. मंद उज्यार भाजचें. भाजल्या उपरांत तो परतिनासतना सकयल काडचो. अशेतरेन एक एक काडीत रावचें. गरम आसतनाच सॉस वा चटणी बरोबर हे उत्तप्पा खावचें.

– सं. मं.

उतारो : पळयात : दिश्ट काडप

उद माजर : स्तनिवर्गाच्या मांसाहारी – गणातलो मुस्टेलिडी कुळांतलो हो प्राणी आसा. ऊद माजर लुट्रा वंशाचे आसून ताचे शास्त्रीय नांव लुट्रा पर्स्पिसिलेटा अशें आसा. ताका पाणमाजरय म्हणटात.

उदमाजर माजरापरस मुंगूसाक चड लागींचें आसा. ताका 'उद' अशेंय म्हणटात. माजराभशेन उद उदीर धरून खाता. नुस्तेंय खाता. उदमाजर मांसापरस फळां चड खाता. गांवठी वा रानमाजर उदापरस चड उग्र आसता. तशेंच उदमाजर माजरापरस मात्शें लांब आनी बारीक आसता. माजराच्या तोंडांत मांस खावपाक वेगळे दांत आसतात तर उदमाजराच्या तोंडात कांय दांत मांसाहाराखातीर तर कांय शाकाहारा खातीर आसतात. माजराचे सुळे, लांब आनी टोकदार आसतात. तशेंच उदमाजराचे सुळेय तशें आसतात. उदमाजराक दाढी आसता पूण माजराक नासता. माजराभशेन उदमाजरय संकश्टांत पडलें जाल्यार ल्हव फुलयता. ताच्या गुदालागसरच्या प्रपिंडांतल्यान कडकसो उग्रगंध द्रव्य भायर पडटा. त्या उग्र वासाक लागून ताचेर हल्लो करपी प्राणी थंयच्यान कड सरता. पूण तें उग्रगंधी द्रव्य उपेगी आसता. ताचो सुगंधी म्हणुनय वापर जाता. दक्षीण भारतांत कांय लोक ह्या द्रव्याक लागून उदमाजरा पाळटात आनी चार दिसांनी एक फावट ताच्या आंगाचे हे द्रव्य काडून विकतात.

उदमाजर भारतांत हिमालयापसून कन्याकुमारी मरेन सगळेकडेन आनी भारताभायरय ब्रह्मदेश, इंडोचायना आनी मलाया देशांत आसा.

उदमाजराचे केंस मोव आनी तुळतुळीत आसतात. ताचो रंग काळसर, तांबूस तपकिरी वा पिंगट तपकिरी आसता. उदाची लांबी (तकली आनी धड) ६५–७५

सें. मी., शेपटी ४०–४५ सेंमी. आनी वजन ७–११ किग्रॅ. आसता.

उदमाजराचे रावप सपाट प्रदेशांत रावपी आसलो तरी वायव्य भारतांतल्या रेंवट, मध्य भारतांतल्या शुद्रूक प्रदेश आनी महाराश्ट्र ह्या भागांत तो रावंक शकता.

न्हंयच्या तळ्याच्या देगेर रावन आनी केन्ना केन्ना उदकांत देंवून नुस्तें धरप, नातर खंयच्याय प्राण्यांक धरून तों खाता.

मध्य भारताच्या शुद्रक प्रदेशांतली तळीं, न्हंयो सुकतगीर ऊद माजर रानांनी वचून हेर प्राण्याची शिकार करून खाता.

उदमाजराच्यो कितल्योश्योच जाती आसात.

मध्यम उदमाजर : इंग्लीश – पाम सिव्हेट, हॉडी कॅट, मराठी – ऊद, उदमांजर, लॅटिन – पॅराडोक्झुरस हरमाक्रो – अइटस, कुळ – व्हिविरिडी.

व्हिव्हिरिडी कुळांतली ही उदमाजरां मनशाच्या वाठारांलागीं वा लागींच रानांनी रावतात. ताची लांबाय ६० सें. मी. आनी शेपडेची लांबाय तितलीच आसता. ह्या उदमाजराचो रंग गाड काळो वा पिंगट काळो आसता. दिसांनी हे झाडाचेर वा घराच्या आडोशाक लिपून बसता आनी रातचे भायर भोंवता. शेताच्या पिकांकय हांचो खूप उपद्रव जाता.

इंडोचायना, पाकिस्तान, भारत, म्यानमार, मलेशिया ह्या देशांनी हीं उदमाजरां दिश्टी पडटात.

व्हडलें उदमाजर : इंग्लीश – लार्ज इंडियन सिव्हेट, लॅटिन – व्हिवेरा सिबंथा. हें उदमाजर मध्यम उदमाजरां परस व्हड आसता. ताच्या फाटिच्या कण्यार काळ्या कुळकुळीत केसांची एक रेग आसता. ताचो गंधपिंड व्हड आसता.

आसाम, उत्तर बंगाल, दक्षीण चीन, नेपाळ, भूतान, म्यानमार, मलाया, सयाम, सिक्किम ह्या देशांनी ही उदमाजरां दिश्टी पडटा.

धाकटें उदमाजर : इंग्लीश स्मॉल इंडियन सिव्हेट, लॅटिन – व्हिवेरिक्युला इंडिका. हे सगळ्यांत ल्हान आकाराचे उदमाजर. ताचो रंग पिंगट आसून ताचेर मोठे तिबे आनी पट्टे आसतात. ह्या उदमाजरांचो राबितो रानांनी तशेंच गांवांतय आसता. ताच्या उग्रगंधी द्रव्याखातीर हीं उदमाजरां मुद्दाम पाळटात. हिमालयाच्या मुळसाणपासून भारतांत सगळ्या वाठारांमेरेन ही उदमाजरां आसात.

– सं. मं.

उपनयन संस्कार : पळयांत : मूंज

उपमा : पळयात : उपीट

उपरणें : दादल्याचें एक उपवस्त्र. मुखेल वस्त्र आंगाक घातले उप्रांत, त्या वस्त्रार छाती, पोट खांदे आनी मान धांपता इतक्या लांबयेचें हें वस्त्र आसता. उपरणें हें उतर उप अधीक आवरण ह्या जोड उतरांतल्यान घडलां आसूं येता. आदल्या काळांत निखटें मुखेल वस्त्र न्हेसपाची पद्दत नासली. मुखेल वस्त्रार कसलें ना कसलें उपवस्त्र घालपाची रीत आसली. हें वस्त्र म्हणजे एक लांब, अशीर कापडाचो पट्टो कसो आसतालो. ताका देग आसताली आनी ताचें एक तोंक एका खांद्यावयल्यान सरळ सकयल कमरामेरेन तर दुसरें तोंक दुसऱ्या खांद्या पोंदसून घेवन

छातयेवयल्यान पयल्या खांद्याचेर फाटल्यान सोडटाले. आदल्या काळांतल्या लोकांचे फोटू पळयल्यार तांच्या मुखेल वस्त्रार उपरणें दिसता. हाचेवयल्यान उपरणें हें त्या काळांतले एक गरजेचें तशें सोबेचें वस्त्र आसलें.

उपरणें हें उतर, दादल्याच्या उपवस्त्राक वापरता आसलें तरी बायलांच्या मुखेल वस्त्रारय उपवस्त्र वापरपाची चाल आसा. बायलेच्या कमरेवयल्या न्हेसणार शेलो वा शाल घालपाची पद्दत आसली. आजय आसा. आधुनीक काळांत बायलां न्हेसणार ओडणी आनी दादलो शेरवानीचेर दुपट्टा अशीं उपवस्त्रां वापरतात.

उपरणें वा उपवस्त्र हो न्हेसणाचो एक प्रकार आसलो तरी तें शिवणिचें वस्त्र नाशिल्ल्यान, आंगावयल्यान सहजतायेन तें वेगळें करूंक मेळटा जाल्ल्यान, थंडी – वता पासून आगाचें संरक्षण करपाखातीर ताचो पांगुरचें म्हण उपेग जातालो. जमनीर विसव घेवचे वेळारय तें आंथरुणासारखें वापरूंक मेळटालें.

– सं. मं.

उपळसाल : (हिंदी – सलसा, मराठी – अनंतमूळ, गुजराती – धूरीवेल, कन्नड – सोगदेवेरिनगिडा, संस्कृत – नाग जिव्हा, लॅटीन – हेमिडेस्मस् इंडकस).

एक वेल. ही वेल झोपासारकी वा जमनीर वाडटात. हिचें मूळ आनी आंग तांबश्या रंगाचे आसता. ह्या मुळाक सुगंधीत वास येता. हाची पानां एकामेकासामकार आसून कांय पानां साधीं आनी अरुंद तर कांय रुंद आसतात. चडकरून ह्या पानांचेर ल्हान–व्हड धवे तिबके आसतात. पानांचे वयले वटेन गाड पाचवीं आनी पोंदच्यान धवीं आसून ताचेर लवां आसतात. देट ल्हान आसून पानांक तेकून फुलांचो तुरो येता. हे वेलीक सु. ०.५ ते ०.६ सेंमी. लांबायेची फुलां फुलतात. हीं फुलां भायल्यांतल्यान पाचवी आनी भितरल्यान जांबळ्या रंगाची आसतात. तशींच सु. १० ते १५ सेंमी लांबाय आनी सु. ०.६ सेंमी रुंदाय, गोल, गुळगुळीत फळाच्या तेंगशेर तोंक, सरळ आनी केन्नाय वाकडी अशी हे वेलीक फळां लागतात. ह्या फळांनी काळ्यो बियो आसतात. धवीं आनी काळीं (cryptolepsis buchanana) अशें उपळसारिचें दोन प्रकार पळोवंक मेळटात. काळे उपळसारिचीं पानां जांबळिच्या पानां भशेन आसतात आनी मूळ काळ्या रंगाचें आसतात.

चडकरून पावसाच्या दिसांनी ही वेल किल्लून येता.

कोंकण भागांनी तशेंच दाट झाडा झुडपां आशिल्ल्या रानांत ही वनस्पत आडळटा.

उपळसारिचें मूळ घरगुती वखद म्हूण वापरतात. कुडिंतलो पित्तदोश इबाडून खोकली मारीत वा धांप लागत, तशेंच खोकली मारून हड्ड्यांत दुखत जाल्यार उपळसारिचो पिठो करून तुपावांगडा पोटांत घेतात आनी वयल्यान गरम उदक पितात. कात खरखरीत जावप, कातिचो रंग इबाडप वा घाम येयत जाल्यार उपळसारिचो पिठो पोटांत घेतात. अशें केल्यार कुडिंतले रगत शूद्ध जावन कातिचे विकार बरे जावपाक मजत जाता. सांध्यांक सूज येवप, सांधे दुखप अशा लक्षणां वेळार उपळसारिचो पिठो पोटांत घेतात. घुंवळ, ओंकारें आयल्यार अशा वेळार उपळसार उदकांत घालून शिजोवन तें उदक पितात. तकली फोडल्यार उपळसारिच्या मुळांचो लेप कपलार लावप. दोळे आयल्यार ताज्या मुळांचो रोस काडून तो गाळून दोळ्यांचेर घालप, तशेंच घावो जाल्यारूय उपळसारिचो लेप घाव्यार लावप. अशे तरेन हे उपळसारिचो वखदी उपेंग जाता.

– **सं. मं.**

उपास : जेवी खायनासतना रावप म्हणजेच उपास. एक संस्कृत श्लोक आसा,

उपावृत्तस्य पापेभ्यो यस्तु वासो गुणैः सह।
उपवासः सविज्ञेयः सर्व भोगविर्वाजतः ॥

हाचो अर्थ पाप कर्मा पासून पयस आशिल्ल्या मनशांच्या सदगुणाबरोबर सांगात करप म्हणजे उपास. हातूंत सगळे भोगापसून पयस रावपाचे आसतात. पातक ना करपाचो एक मार्ग म्हणल्यार उपास. तशेंच बृहदारण्यक उपनिशदांत अशें म्हळां, की देव मेळोवपाचो उपास हे एक साधन जशें,

तमेंत वेदानुवचनेन ब्राम्हणाविविदिषन्ति
यज्ञेन दानेन तपसाऽनाशकेन।

हाचो अर्थ वेदवचनाचो आदार घेवन यज्ञ, दान, तप आनी उपास हे देव मेळोवपाचे मार्ग आसात. तप करपात, उपासाक खूब म्हत्व आसा. उपास तरे तरेचे आसतात. कांयच खाय नासतना उदकाचेरूच रावप असोय उपास करतात. कांय कांय दीस, दीस भर उपास करपाचे आसतात. जशें एकादस, शिवरात्र, रामनम, जन्माश्टम हें सगळें दिसभर उपास करतात. दनपरां फळार खावप अथवा मुगाचे कण्ण, चपाती अशें खाण खावप. तशेंच संकश्टी, विनायकी, प्रदोश ह्या दिसांनी एक वेळचेंच जेवण करप. ताचेभायर कांय दीस उपास करपाचे आसतात. सोमार, मंगळार, बिरेस्तार, शुक्रार, शेनवार ह्या वारांनी चडशे लोक दनपारां जेवतात आनी रातचे जेविनात. उपासांत दिसाचे न्हिदप नासता. तशेंच दाग दागिने घालचे नासता. मैथून करचें नासता. तेचप्रमाण अती कितेंच करचें नासता. जो मनीस कसलेंय व्रत करता, ताचेकडेन जर उपासकरपाची शक्त नासत, तर ताचे वतीन ताचो पूत, भयण, भाव वा ताचे बायलेन उपास केल्यार जाता. शास्त्रांत अशेंच म्हणलां, की व्रत करणाऱ्यांक जर शक्त नासत, तर ताणें ब्राह्मणाक जेवण दिवन व्रत करूं येता. शास्त्रांत अशेंय म्हणलां, की सगळ्यांत श्रेश्ठ उपास म्हणल्यार फक्त रातचे जेवप. फळां, तीळ, तूप, दूध, उदक हेंच खावन जो रावता तो उपास श्रेश्ठ.

सगळ्या धर्मांत उपास करतात. जैन धर्मांत तर ताका खूब म्हत्व आसा. ताणें सगळ्यांकूच उपास करपाक सांगलां. तांच्या धर्मांत अखंड ४२ दीस उपास करचो अशें सांगलां. तांच्या धर्मांत

उपासावेळार उदकूय पिवनयें अशें सांगला. किरिस्तांव धर्मांतूय उपास करपाचे दीस आसतात. वर्साचे तांचे थारायल्ले दीस आसतात.

येसू क्रिस्ताक आपल्याक मारतले म्हूण पयलींच कळिल्ले त्याखातीर ताणें ४० दीस देवाची प्रार्थना करपा खातीर कांयच खायनासतना उपास केल्लो. क्रिस्ती लोक ते दिसापासून जेजूक सुळार मारून तो परत जितो जाय मेरेन उपास करतात. ज्या दिसा ख्रिस्ती लोक उपास सुरू करतात त्या दिसाक गोबरा बुधवार (Ash Wednesday) म्हणटात. ते दिसा गोबोर कपलाक लायतात. आनी उपास सुरू करतात. उपास 'इश्टर' ह्या फेस्तान सोंपता. जें किर्ते वर्सभर वायट बरें केलां तें ताणें चितचे आनी फुडें वायट करूं नये म्हणून देवाची प्रार्थना करची. होय ताचे फाटलो एक सामाजीक हेतू आसा. मुसलमान धर्मांतय उपास करप आसा. तें म्हयनोभर उपास करतात. ताका रोजा म्हणटात. तें दीसभर कांयच खायनासतना उपास करतात. अशें म्हणटात, की तें उपास वेळार आवंडो सुद्धा गिळी नात. सूर्य उदेतकीच तें सूर्य अस्ताक वच मेरेन कांयच खायनात तातूंत एक सामाजीक अर्थ आसा. गरीब लोक जें भुकेल्ले आसतात तांकां शरिराक कशें त्रास जातात हें मुसलमान समाजांतल्या गिरेस्त लोकांक भावचें होय ताचे फाटलो एक हेतू आसा. रोजा सोंपता तो रमजान ईद ह्या परबेन. रमजाना दिसा तें गरिबाक दान करतात. पारसीं धर्मांत उपास करपाचो नासता.

जे दिसा गिराण आसता वा एकादस आसता तेन्ना चंद्र सूर्य आनी धर्तरेची स्थिती वेगळे तरेन आसता. जाका लागून वातावरणांत बदल जाता. हाचो प्रभाव कुडिचेर जाता. कुडींत उश्णता वाडटा. हे दोश, ना करपाखातीर मनशान उपास केलो जाल्यार बरें अशें धर्मशास्त्र सांगता.

राजकीय मळार वा सामाजीक मळार महात्मा गांधीन उपास हे एक अस्र म्हणून वापरलां. अहमदाबादच्या कामगाराचो जेन्ना गिरणिच्या धनयांनी बोनस जेन्ना रद्द केलो तेन्ना गांधिजीन हो प्रस्न सुटचो म्हूण उपासाक सुरवात केली. ब्रिटीश राजवटींत अस्पृश्यांक विभक्त मतदार संघ दिवपाचे मान्य करतकच महात्मा गांधीन ताका विरोध करपाखातीर आमरण उपास सुरू केलो. हो प्रश्न रोखडोच सुटलो. ८ मे १९३३ सावन पातकाचे प्रायश्चीत म्हूण २१ दिसांचो उपास सुरू केलो. १९३४ त ताकां बंदखणींत घालतकच उपासाक सुरवात केली. ताका मागीर रोखडोच सोडलो. भारत स्वतंत्र जातकूच १३ जानेवारी १९४८ दिसा देशाचे वातावरण निवळचे आनी भारत सरकारान पाकिस्तानाचे ५५ कोटी तांकां दिवचे म्हूण गांधिजीन आमरण उपोशण करुन हो प्रस्न सोडयलो. राजकारणाच्या मळारय उपासाक एक वेगळे म्हत्व आयलां.

– श्री. माणिकराव राम नायक गावणेकार

उपीट: एका तिखशा शिऱ्याचो प्रकार रवो, उदक, हरव्यो मिरसांगो, कांदे, करबील, उडदांची दाळ, सांसवां, हींग, तेल, मीठ, साखर हें सगळे साहित्य वापरून तयार केल्ल्या पदार्थाक उपीट अशें म्हणटात. हाका उपमा आनी तिखसो शिरो अशेंय म्हणटात.

साहित्य : २ वाट्यो रवो, ४ वाटी उदक, २ हरव्यो मिरसांगो, २ कांदे (आडवे बारीक चिरचे), ७-८ करबीलाची पानां, १/२ चमचो उडदांची दाळ १/२ चमचो सांसवां, १/२ चमचो हींग (पिठो), ४

व्हडले चमचे तेल, रूचीपुरतें मीठ, १-२ चिमटिभर साखर.

रीत : सगळ्यांत पयलीं ४ वाटयो उदक खतखतावन घेवचें, उपरांत लोकणें तापत दवरचें, लोकणें तापतकच ४ व्हडलें चमचे तेल ओतचें, हें तेल तापल्या उपरांत हींग, उडदांची दाळ, सांसवां फोडणाक उडोवंची, सांसवां फुरफुरतकच मिरसांगो (बारीक चिरिल्ल्यो), कांदो, करबील मात्सो तळसुवचो. कांद्याचो रगं मात्सो बदलतक २ वाट्यो रवो घालून बरो फुलोवचो, डोलरातो फुलयल्या उपरांत खतखतावन घेतिल्लें उदक, रव्यांत ओतचें, साखर उडोवची, मीठ घालचें आनी बरें चाळचें. रवो बरो शिजचो म्हूण ताचेर धापणें धापून पांच मिनटां दवरचें. उपरांत धापणें काडचें, एकदांच चाळचे आनी सकयल काडचें. हें उपीट सकाळीं वा सांजे च्याचे वेळार खावचें. खातास्तना उपीटाचेर बारीक शेव घालून खांवचें. आनीकूय रूचीक लागता.

उपीटाची आनीकूय रूच वाडोवपाखातीर पाचवें वाटाणें आनी गाजर (बारीक चिरून) मिरसांगो, कांदो, करबील तळशितात तेन्ना वाटाणें आनी गाजर घालून तळसुचे.

– सं. मं.

उफार : धार्मीक संदर्भ आशिल्लें अन्न (निवेद) . सुरय तांदूळ, सोय (नाल्लाची), चण्यांदाळ आनी साखर /गोड अशे पदार्थ उदकांत शिजोवन आटयल्ल्या अन्नाक उफार म्हणटात. हो उफार देवाक निवेद म्हणून दाखयल्या उप्रांत तो देवाचो प्रसाद म्हणून घरचे लोक खातात.

सदच्या जेवणांतले पदार्थ, करपाची सोपी रीत आनी तो तयार करपाक लागपी उणो वेळ हाचेवयल्यान, उफार हो निवेद प्रकार सामान्य लोकांनी आपले तांकिप्रमाण आपणायल्लो प्रकार दिसता. तशेंच तांतलें सादेंपण पळयल्यार तो खूप आदल्या काळांतलो प्रकार दिसता. आजय आयच्या काळांतले आधुनीक अन्न पदार्थ देवाक निवेद म्हणून दाखयता आसले तरी परंपरा म्हणून हेर निवेद्यावांगडा देवाक उफार दाखोवपाची रीत आसा. तशेंच ल्हान ल्हान सोपो असो निवेद म्हणून फकत उफारच देवाक दाखयता. कांय धार्मीक सुवार्तिंनी हेर आंगवणीं वांगडा उफाराची आंगवण देवाक करतात. आनी उफार शिजोवन वा उफाराचे पदार्थ (जेवो) दिवून ही आंगवण पुरी करता मेल्ल्या जाण्टेल्यांच्या नांवान तांच्या स्राद्धादिसा उफार (कांकोळ) करून तो घराच्या पांख्यार दवरतात आनी जाण्टेल्यांच्या नांवान तो कावळ्यांनी खावचो म्हणून तेन्ना कावळ्याक साद घालता. कावळ्यान खाल्लो उफार जाण्टेल्यांक पावता अशी समजूत आसा.

– सं. मं.

उभयकर, एस. कृष्णराव : (जल्म ३१.१२.१९१२)

आदल्या काळांतलो कर्नाटकांतलो भरत नाट्यम कलेंतलो एक व्हड कलाकार आनी शिक्षक. रसायनशास्त्रांतले पदव्युत्तर शिकप घेतले उप्रांत, ताणें आपणाची आवड आशिल्ल्या भरतनाट्य मनाच कलेचें शिकप चालू दवरलें. हे कलेतलें सुर्वेचें शिकप ताणें कोजर पुट्टप्पा हाचें कडल्यान घेतलें. फुडें हेच कलेंचो अभ्यास करपी चंद्रभागा देवी हिचेकडेन ताचें लग्न जालें. उप्रांत दोगांनीय, सांगातान, हे कलेंत

जायते प्रयोग केले आनी जायतीं जैतां जोडलीं.

ह्या जोडप्यान, फुडलें शिकप गुरू पंडनाल्लुर मिनाक्षी सुंदर पिल्लई हाचेंकडल्यान घेवन मागीर 'महामाया' नांवाची संस्था स्थापून तिचेंवरवीं देशी परदेशी विद्यार्थ्यांक भरत नाट्यमचे वर्ग, ह्या नाचाचें सादरीकरण, प्रात्यक्षीकरण, परिसंवाद आनी हेर कार्यावळी आयोजीत केल्यो.

कृष्णराव, हाची बंगळूर विश्वविद्यालयांत १९७२ ते १९९७ मेरेन मानद प्रोफेसर म्हणून नेमणूक जाली. चंद्रभागा देवीन भारतीय विद्या भवनात (बेंगळुर) १९७१ ते १९८५ मेरेन प्रोफेसर म्हणून काम केलें. म्हैसूर सरकारान, १९६५ ते १९६७ मेरेन तांकां दोगांकय लंडनच्या आशियन मुजीक सर्कल धाडून, थंयच्या परदेशी विद्यार्थ्यांक भरत – नाट्यम् शिकोवन तांचेकडल्यान भारतीय संकल्पनेचेर भरत नाट्यमावरवीं नाच – नाट्याचे प्रयोग करून घेतले. ह्याच संदर्भातल्यान ताणें जपान, हाँगकाँग, बँकॉक, इंग्लंड, अमेरिका, कॅनडा आनी हेर देशांची भोंवडी केली. ताणें Dictionary of Technical terms of Bharatya Natyam (इंग्लीश) आनी भारत नाट्यम निघान्तु (कन्नड) नृत्य कला, A panorama of Indian dances हीं पुस्तकां बरयल्यां.

कृष्णराव हाका कर्नाटका नृत्य कला परिशद हे संस्थेचें अध्यक्षपद आनी चंद्रभागा देवीक कर्नाटक संगीत नाटक अकादमीचें अध्यक्ष पद फाव जाला.

तांकां नाट्य कला शिरोमणी (१९८७), राश्ट्रीय नाच पुरस्कार – कलकत्ता (१९८४), कर्नाटक राज्योत्सव पुरस्कार (१९९३), विश्व साथी आश्रम पुरस्कार (१९९४) आनी हेर पुरस्कार फाव जाल्यात.

– सं. मं.

उमाणें (कुवाडें) : गुपीत/गुढ आशय आसलो, आकर्शक उतरांनी विचारिल्लो कूट प्रस्न. उमाण्यांक कुवाडें घालप म्हणटात. किरिस्तांव समाजांत ताका 'पारखणें' हें उतर घोळटा. गुढार्थ आसल्यार उमाण्याचे दोन भाग आसता. पयल्या भागांत प्रस्न आसता आनी दुसऱ्या भागांत ताची जाप आसता. आदल्या काळांत उमाणीं गुढ श्लोकांत घालताले आनी त्याच श्लोकाचे अखेरेक प्रस्नांची जाप आसताली. पूण जेन्ना उमाणीं घालप आनी तांच्यो जापो दुसऱ्यांकडच्यान घेवप आनी त्यो मेळल्योना तर उमाणीं घालतल्यान जापो दिवंक ना शकिल्ल्यांक हारोवप अशी प्रथा सुरू जाली तेन्नाच्यान उमाण्यांतल्यान जाप मेकळी जाली आनी उमाणें फकत कूट प्रस्न जावंन रावलो.

आदल्या संस्कृत वाङ्मयांत बरेच कूट प्रस्न मेळटात. त्या काळांत विद्वानांची विद्वत्ता पारखुपाक वा थारावपाक कूट सर्त आयोजीत करताले. राजाच्या दरबारांत अशे कूट सर्तींत विद्वानांचे विद्वत्तेचो निर्णय लागतालो. जो कोण हारतालो तो आपली विद्वत्तेची फाटली जोड (पुरस्कार, किताब) जो कोण जिखता ताचे सुवादीन करतालो. हार-जितेची राजदरबारांत नोंदय करप जाताली. संस्कृत भाशेंतलो एक कूट प्रस्न.

अपश्यं गोपमनिपद्यमानमा च परा च
पथिभिश्चरन्तम्।
स सध्रीचीः स विषू चिर्वसान आ वरिवर्ति
भुवनेष्वन्तः॥

अर्थ : हांवेन एक राखणो पळयलो. तो सकयल पडना. तो आपल्या मार्गांर वयर आनी सकयल भोंवत आसता. जीं एकठांय धांवतात आनी

जांची पांगापांग जाता, त्या वस्त्राचें आवरण तो आपल्या आंगार घेता आनी विश्वांत वाटकुळो भोंवता.

ह्या कूट प्रस्नाची जाप सूर्य आसा. वस्त्र म्हणजे किरणां आनी वाटकुळो भोवप म्हणजे सुर्याचें भ्रमण आसा.

महाभारतांतल्या वनपर्वांत एका यक्षान धर्मराजाक कांय कूट प्रस्न घाल्ले. ते यक्षान घाल्ले देखून तांकां यक्ष प्रश्न म्हणटात.

एक यक्ष प्रस्न :

किं नु हित्वा प्रियो भवति किंनु हित्वा न शोचति।
किंनु हित्त्वाऽर्थवान् भवति किंनु हित्वा सुखी भवेत्॥

अर्थ : कितें सोडल्यार मनीस प्रिय जाता? कितें सोडल्यार दुख्खाभायरो जाता. कितें सोडल्यार अर्थवान जाता? कितें सोडल्यार सुखी जाता?

ह्या कूट प्रस्नाक धर्मराजान जाप दिली ती अशीः

मानं हित्त्वाप्रियो भवति क्रोधं हित्त्वान शोचति।
कामं हित्त्वाऽर्थवान् भवति लोभं हित्वा सुखी भवेत ॥

अर्थ : अभिमान सोडल्यार मनीस प्रिय जाता. राग सोडल्यार तो दुख्खाभायरो जाता. काम सोडल्यार अर्थवान जाता. आसक्ती सोडल्यार सुखी जाता.

अशेच कूट प्रस्न यक्षान गौतम बुद्धाक विचारिल्ले आनी बुद्धान ताच्यो योग्य जाप दिल्ल्यो असो बौद्ध साहित्यांत उल्लेख मेळटा.

सांकेतीक उमाणीं (कूट प्रस्न) घालपाची परंपरा संस्कृत आनी प्राकृत अशा दोनय भाशांनीं चलत रावली. हाची देख वेताळपंचविशिंतले वेताळान राजा विक्रमादित्याक विचारिल्ले प्रस्न आनी ताका राजान दिल्ल्यो जापो कथानक रुपांत मेळटात. ताच्यायफुडें महाराष्ट्रांतल्या लावणी ह्या संगीत – नाच प्रकारांत कलगीवाले आनी तुरेवाले ह्या दोन संगितकारांमदीं अशीच प्रस्नोत्तरी आनी हार जीत चलता. मुसलमान समाजाच्या उरूसावेळार जावपी प्रस्नोत्तरिचो कव्वाली ह्या संगीत प्रकारांत दोन गटांमदीं (खुपदां दादलो – बायल गटांमदीं) मुकाबला चलता. कोंकणांत कालो वा जागोर, उत्सवांत काल्यांतलीं संकासूर आनी मत्स्यावतार हीं पात्रां तशे पेरणी जागरांतलीं प्रलंभासूर आनी माया (म्हातारी) हीं पात्रां एकमेकांक कुवाडीं घालून संवाद सादतात. काल्यांतल्यो दोन देखी सकयल दिल्यात.

भांडयो तुरु तुरु करतालो
सिंचोर तिचे भोंवती भोंवतालो
तांबडें घालून धवें कडटालो
कानोबा सांगपा तेचें नांव

(जाप : दातें)

नाडी झिजली, झिजली
तेच्या गळयाक लायली दोरी
हात लायल्यार बोबाट मारी
कानोबा सांग पातेचें नांव

(जाप : घुमट)

आदल्या काळांत गांवांतल्या गांवकाऱ्यांचे मेळपाचे मध्यवर्ती सुवातिचेर, वा घरांतले बसकेर जाण्टे एकमेकांक वा जाण्टे भुरग्यांक उमाणीं घालताले. तशेंच शेतांत काम करपी कामेऱ्यांय एकामेकांक उमाणीं घालतालीं. अशीं उमाणीं घालपांतल्यान मनोरंजनां वांगडाच गिन्यान जोडपाचो तसो रिकामो वेळ काडपाचो उद्देश आसतालो. काम करताना उमाणीं घालपांत आनी तांच्यो जापी सोदपांत कामाचो त्राण विसरायेर घालपाचो उद्देश आसतालो.

हालिंच्या काळांत म्हणी, उमाणीं, उखाणें अशे आशय प्रगटीकरणाचे गांवगिरे प्रकार उणें जाल्यात. उमाण्यांची माहिती आशिल्ली जाण्टी पिळगीय आतां उरूंक ना. उमाण्यांच्या जाग्यार मनोरंजना वांगडा वेळ सारपाची अंताक्षरी ही पदाच्या निमण्या अक्षरावयल्यान फुडलें पद म्हणपाची कार्यावळ अस्तित्वांत आयली. हातूंतय दोन पगडांमदीं सर्त जावन हारजीत थारता. पूण उमाण्यांतली बुद्धीमत्ता पारखुपाची तांक 'अंताक्षरी'त तितकी नासता.

कांय कोंकणी उमाणीं :

१) आराटून तराटून बांदलो भोरो
म्हजें उमाणें सांगता ताका कट्टीभर सोरो.

(जाप : केसांचो आंबाडो)

२) तार तार तारलें
विजापूर मारलें
बारा वर्सां तप केलें
पूण हाताक ना लागलें

(जाप : रुमडा – फूल)

३) आगो आगो केंकल्या आका
रातीं – बितीं भोवू नाकां
तुका पळयल्यार म्हाकां खाता.

(जाप : आंबाडो आनी सुंगट)

४) गड गड जाता पावस कांय न्ही
फाटल्या हातान बांदून घाला
चोर कांय न्ही
माथ्याक मुकूट आसा देव कांय न्ही
तर तो कोण

(जाप : गुडगुडी)

५) इल्लिशी चिचूबाय,
भाजून भाजून तोंडाक लाय

(जाप : विडी)

६) इल्लोसो पोर घर राखूंक थोर

(जाप : कुलूप)

७) हाडले शंभर, खाले शंभर
भायर उडयले दोन शंभर

(जाप : खुबे आनी शिंपयो)

– सं. मं.

उरफाटी (पर्ती) कांटी : एक वखदी वनस्पत. Capparis Zeylanica अशा लॅटीन नांवान ह्या झाडाक वळखतात. बारीक उरफाटे कांटे आसतात, देखून ह्या झाडाक 'उर्फाटी कांटी' म्हण वळखतात. ह्या झाडाक फळां लागतात आनी तीं दिसपाक आंबाडच्या भशेन आसता. ही फळां वखदी आसात. ह्या झाडाचो खूब बरे तरेन वखदी उपेग करूं येता. ह्या झाडाचें पाळ हून उदकांत झरोवन दंतांनी जोर येत जाल्यार, तशेंच हागवण जाल्ल्या ल्हान भुरग्यांक पिवंक दितात वा माथ्यार लायतात. तशेंच 'मोडण्याक' वा 'घुंवळीक' लेगीत तें उपेगाक पडटा. हें झाड रानटी आशिल्ल्यान तें चडकरून कोंकणांत रानांनी पळोवंक मेळटा.

जाका 'नड' आसा ताकाच ह्या झाडाचे कांटे लागतात असो कांय लोकांचो समज आसा. हें झाडा दुसऱ्या झाडाचो आदार घेवन चडून, वयर वता. गांवांत "देवाचीं झाडां" म्हण जीं कांय झाडां मानतात, तातूंत ह्या झाडाचो आस्पाव जाता. वयर सांगिल्ले वखदी उपाय करचे पयलीं जाणकाराचो सल्लो घेवन करचे.

– सं. मं.

उरूस : उरूस वा उर्स हें इस्लामी धर्मांतलें नांव. ह्या नांवाक दोन अर्थ आसात. (१) लग्नानिमतान घाल्ली जेवणावळ, (२) व्हड पुण्यवंत मुसलमान मनशाचे पुण्यतिथिनिमतान जावपी उत्सव.

दुसऱ्या अर्थान उरूस वा जुलूस हीं नांवां वापरतात. मुसलमानांच्या मताप्रमाण हो एक खंयच्याय फकीर, पीर वा महात्म्याचे पुण्यतिथिच्या निमतान केल्लो उत्सव. देखीक – गौस लाजम, दस्तगीर, दादा हयात, कलंदर ह्या सारक्या मुसलमान सत्पुरुशांचे दरेक वर्सा येवपी पुण्यतिथिनिमतान हो उत्सव आसता. ह्या दिसा खूब लोक एकठांय जमतात. महात्म्याची कबर निवळ करून तिका नवीं वस्त्रां घालून सजयतात. मुसलमान लोक आपली धार्मीक पदां म्हणटात. नमाज करतात आनी थंय दिवो लायतात. पुण्यतिथिच्या आदल्या दिसा सावन उरूसाक सुरवात जाता. ताका 'संदल' म्हणटात. ह्या उत्सवा निमतान खूब लोक एकठांय येवन ताका जात्रेचें स्वरुप आयले आनी फुडें ताका उरूस म्हणूंक लागले आसूंक जाय. धार्मीक विधी वांगडाच उरूसांत कव्वाली सारख्यो संगिताच्यो मनोरंजनाच्योय कार्यावळी आयोजीत करतात.

– सं. मं.

उल्लाल साबूर, शंकरराव : (जल्म १४.०१.१८९३ मंगळुर, मरण : १९५० मद्रास)

कर्नाटकांतलो एक शिक्षण तज्ञ. ताचें शिकप मंगळूर आनी मद्रास हांगा जालें. ताणें इंग्लंडाक वचून लंडन विश्वविद्यालयांतल्यान गणित विशयांत एम्. एस्. सी. केली. १९१७ त ताका कँब्रीज विश्वविद्यालयाची रँगलर ही उपाधी आनी १९१९ त ताका सर आयझाक न्यूटन ॲस्ट्रॉनोमीकल रिसर्च शिश्यवृत्ती मेळून ताची रॉयल ॲस्ट्रोनोमीकल सोसायटी ऑफ लंडनच्या फेलोखातीर निवड जाली. ताका गणितांतलो सगळ्यांत व्हडलो पुरस्कार समजता तो कँब्रीज विश्व विद्यालयाचो स्मीथ पुरस्कार फाव जालो.

ताणें प्रोफेसर आनी प्रिन्सीपाल म्हणून पालघाट हांगां काम केले आनी उप्रांत मद्रास प्रेजीडेन्सीचो तो शिक्षण संचालक जालो. संचालक जावपी तो पयलो भारतीय आसलो.

– सं. मं.

उसळी : एका खाणाचें नांव.

लागपी जिन्नस : (६ जाणांखातीर) एक वाटी मसूर/वाटणो/मूग/चवळी (जांव भिजयल्लें, कोंबायल्लें, खंयचेय कडुण), तीन मध्यम आकाराचे कांदे, एक धाकटें कुलेर (चमचो) मिरसांगे पिठो, धाकटें अर्द चमचो - मिरयांचो पिठो, धाकटें अर्द चमचो - हळदी पिठो, एक धाकटें कुलेर भाजिल्ले कोथमिरो पीठो, रुचिपुरतें मीठ, चिमटीभर साखर वा गोड.

तयार करपाच्यो पद्धती :

१) मसूर/वाटणो/मूग/चवळी जांव खंयचेय कड्डण १०-१२ वरां भिजल्यार चड बरें तीन वाटी उदक तापोवन दवरपाचें. उदक खतखततकर तातूंत मसूर घालात. पांच मिनिटांनीं तांतूत चिरिल्लो कांदो घालात. मसूर आनी कांदो भिजतकच सगळे साहित्य घालात आनी उदक आटसर शिजयात.

तरां : २) उसळी (लसूण आनी आल्यासयत) ६ जाणांखातीर

लागपी जिन्नस : एक वाटी मसूर (वा हेर कुड्डण), आलें (मध्यम कुडको), धाकटें अर्द चमचो हळडी

पिठो, तीन हिरव्यो मिरसांगो, दोन मोठी कुलेरां तेल, तीन मध्यम कांदे, ६ लसणी बोयो, एक मध्यम पिकिल्लें तोमात, एक मोठे कुलेर कोथमीर पालो, रूची पुरतें मीठ.

तयार करपाची पद्धत : तीन वाटयो उदकांत मसूर शिजयात. कांदो बारीक शिनात. आलें – लसूण, हिरव्यो मिरसांगो वाटपाच्यो. टोमेटां बारीक चिरपाची कोथमिरी पालो बारीक चिरपाचो.

दोन मोठी कुलेरां तेल कायलींत तापयात. तातूंत कांदो तळशियात. तातूंत वांटिल्ली आलें – लसूण, पाचव्या मिरसांगांची चटणी घालात. दोन मिनटां तळशियात. तातूंत टॉमेटो, चिरिल्लो कोथमीर पालो हळदी पिठो, आनी तातूंत शिजिल्ली मसूर आनी मीठ घालात. जाय जाल्यार इल्लें उदक घालून दोन मिनटां शिजयात.

३) शिवराक उसळी : (६ जाणांखातीर)

लागपी जिन्नस – एक कप मसूर/वाटणो/मूग/चवळी (भिजिल्लीं जांव कोंबयल्लीं) धाकटें १ कुलेर सांसवां), धाकटें अर्द कुलेर हिंगाचो पिठो, अर्द धाकटें कुलेर हळदी पिठो, २ वा ३ हिरव्यो मिरसांगो वा एक धाकटें कुलेर सांबार, एक मोठें कुलेर कोथमिरो पालो, अर्द वाटी नाल्लां सोय, रूची पुरते मीठ, २ चमचे तेल, अर्द चमचो साखर वा अर्द चमचो गोड. तयार करपाची पद्धत : कायलींत तेल घालून तापयात. तातूंत सासवां घालात. सांसवां फुल्लीं काय हींग घालपाचो. मंद उजो करून ताचेर हळद जांव मिरसांगो पिठो आनी सांबार घालपाचो. अर्द मिनट तळसून तातूंत उदक घालपाचें आनी मसूर शिजवपाची. मसूर शिजतकच तातूंत सोय आनी कोथमीर पालो घालपाचो. चवीक मीठ जांव साखर वा गोड घालपाचें.

ह्यो तीनी तरांच्यो उसळ्यो मटकी, पाचवे चणे, धवे वाटाणे, चणे, हळसांदे, मूग, मुगाची दाळ जांव हेर कड्डणाची करूं येता. बटाट वा कणूंगांय घालतात. तरेक तरांच्या कडुणाची सुकी भाजी म्हळ्यार उसळी. गोंयकारांकडेन उसळ्यो हो प्रकार आत्र्यापयऱ्यान करप जाता. महाराश्ट्रांतय अश्यो तरेकवार उसळ्यो करप जाता. देवकार्याक, खूब फावटीं कांद्या – लसूण विरयत फोडणी दिल्ल्यो उसळ्यो करप जाता. कोंबयल्ल्या कड्डणांत पौश्टिकताय मेळटा. प्रोटीन्सय मेळटा. आनी त्यो चड रूचीक लागतात.

– श्रीमती सुधा सुरेश आमोणकार

चण्याची उसळी : साहित्य : १/२ कि. वाटाणे, ६ हरव्यो मिरसांगो, १ कुलेर सांसवां, १ धाकटे कुलेर जिरें, एक वळ्याची सोय १ धाकटे कुलेर कोथमिऱ्यो, रूचीपुरतें मीठ, गॉड आनी हींग.

रीत : वाटाणें कुकरांत शिजोवन घेवचें.

सोय, जिरें, लवंगां, कोथमिऱ्यो आनी मिरसांगो मोट्योशोच वांटून घेवच्यो. शिजयिल्ल्या वाटाण्यांत हें सगळें वांटप घालचें. मीठ आनी गॉड तातूंत घालून सगळें बरें शिजोवचें. मागीर हे उसळेक हींग आनी सांसवांची फोडणां घालचीं.

अशेतरेन अळसांदे, मूग, सूरण, निरपणस, कणगां, किल्ल हांचीय उसळी करूं येता.

– सं. मं.

ऊय : (मराठी – ऊ, इंग्लीश – लाउस, क्रॅब लाडस, लॅटीन – थिरसप्युबिस (क्रॅब लाउस) पेडिक्युलस व्हरा कॅपिटिस, व्हरा, कार्पोरिस).

मनीस आनी हेर मोनजात (सुकर्णी, जनावरां) हांच्या तकलेवयल्या वा हेर आंगावयल्या केंसांनी

रावपी आनी रावतल्याच्या आंगांतल्या रगताचेर जगपी एक ल्हान जीव. ताची लांबाय १.५ ते ३.५ मि. मी. आनी रंग धवसार आसता. पांय घट्ट आनी तांच्या तोंकाकडेन आंगांत रोमून चलपाखातीर कुसां आसता. तोंडाकडेन तोंकदार सोंडयेसारक्या अवयवान ती रगत ओडून घेता. ऊयो तांतयां घालता. हांकां लिको म्हणटात आनी त्यो केंसांक एकावयर एक अशो दसून रावता. ऊयेचीं पोरां, जांकां 'भड्डुंगां' म्हणटात तीं लिकांतल्यान ७-८ दिसांनी भायर पडटात. १५ ते २० दिसांनी ऊयेची पुराय वाड जाता आनी २२ दिसांनी ती प्रजोत्पदनाखातीर तयार जाता. मोनजातिचेर वाडपी ऊयांचो आकार मनशाचेर वाडपी ऊयेच्या आकारापरस व्हड आसा. तांकां चिरवो म्हणटात. मनशाच्या आंगावयल्या केंसांक, चडकरून जांगांमदल्यां केसांक वाटकुळ्यो, पातळ आनी तांबशा - काळशा रंगाच्यो उयो जाता तांकां कोळ ऊयो म्हणटात.

सारकें न्हांवप - धुवप ना, म्हेळे कपडे घालप अशे संवयेन ऊयो जाता. तशेंच ऊयो पडिल्ल्या मनशाचे कपडे, दांतोणी वापरल्यार वा ताच्या केंसांक केंस लागले तर एका मनशाकडल्यान दुसऱ्या मनशाकडेन ऊयो पावतात. ऊयो पडटकीर केंस शाब्बान धुवून आनी बारीक दांताचे दांतोणेन केंस उगोवन, केंसांतल्यान ऊयो काडपाक जाता. खोबरेल तेलासारक्या साद्या तेलाचो वापर केंसांखातीर केलो तर, तेलाच्या थरान ऊयांचें उस्वास घेवपाचे इंद्रीय बंद जाता आनी ऊयो मरतात. फकत ऊयो मरपाचेंच खाशेलें कीटक नाशक अशें तेल बाजारांत मेळटा. पूण हाचो वापर जतनायेन करचो आसता. कारण तें कुडिच्या हेर आंगाखातीर अपायकारक आसता.

हिसपाभायर ऊयो पडल्यो तर, आदल्या काळांत केंस दांतोणेन उगयताना केंसां पोंदा जळटे इंगळे दवरताले. इंगळ्याच्या धगान ऊयो जाम जाताल्यो आनी तेभायर उगोवन काडिल्ल्यो ऊयो, इंगळ्यार आपशींच भाजून मरताल्यो.

आदल्या काळांत केंसांतल्यो ऊयो काडपाची खाशेली पद्दत आसली. एक बायल दुसरे बायलेच्या केंसांतल्यो लिको, ऊयो आपल्या हाताचे चिमटेन काडटाली आनी आपल्या नाखटांपोंदा मारताली. केन्ना केन्ना चार पांच बायलां, एके आळीन, एकमेकांफाटल्यान बसून, आपणा मुखावयले बायलेच्या केंसांतल्यो ऊयो काडटाली. हाका 'केंसांत पळोवप' अशें म्हणटाले. गांवगिऱ्या वाठारांत फावल्या वेळेंतलो हो नित्त्याचो वावर आसतालो.

केंसांतल्यो ऊयो काडपाचेर एक लोककाणीय आसा. एका मनशाच्यो दोन बायलो आसल्यो. दोगींय सवतींमदीं एकामेकाचो दुस्वास आसलो. एकदां एके सवतीन दुसरे सवतीक ना करून उडोवपाच्या इराद्यान तिच्यो ऊयो काडपाच्या निमतान तिका खणिच्या कांठार बसयली, आनी आपूण ऊयो काडपाक म्हणून तिच्या फाटल्यान बसली. ऊयो काडटां काडटां तिणें अकस्मात आपणामुखार बशिल्ले आपले सवतीक फाटसून धुकलून उडयली. सवतिच्या दर एका कर्तुपाचो सदांच मनांत दुबाव दवरून आशिल्ले मुखार बशिल्ले बायलेन, ऊयो पळोवपाच्या वेळार आपल्या केंसांची गांठ आपणाफाटल्यान बशिल्ले आपले सवतिच्या केसांक आदींच मारून दवरिल्ली. जेन्ना तिका धुकलून खणींत उडयली तेन्ना केंसांच्या गांठीक लागून तिची सवतय खणींत पडली. हाचेंवयल्यान कोंकणींत एक म्हण घडल्या ती अशी : आपूण मरत तर सवतीकय व्हरन.'

- सं. मं.

ऊस (कब्बू) : (मराठी – ऊस, मल्ल्याळम – करिंथु, कन्नड – कब्बू, तुळु – करंबु, गुजराती – शेरडी, हिंदी – ईख, संस्कृत – इक्षु, शास्त्रीय नांव (लॅटीन) सॅकॅरम ऑफीसीनेरम, इंग्लीश : शुगर केन).

ऊस ही ग्रामिनी (पोआसी) कुळांतली वनस्पत. म्हणजे ही वनस्पत तणाच्या प्रकारांतली आसा. उशिचे आरुंडीनासीयम (Arundinaceum), स्पोन्टेनियम (Spontaneum), रोबुस्टम (Robustum) अशे वेगवेगळे प्रकार आसात. काणाचो रंग, काणाची लांबाय, आकार, लागवडिची तरा, साखरिचें प्रमाण हाचें वयल्यान प्रकार आदारून आसात. सॅकॅरम ऑफीसीनेरम प्रकाराचो ऊंस वेपारी तत्वाचेर लावपांत येता. ह्या प्रकारच्या ऊसांत चड प्रमाणान साखर आनी खूप उण्या प्रमाणांत चोथो (Fibre) आसता. उशिचीं पानां अशीर, लांबशीं, जोधंळ्याच्या पानावरी आसता. ऊशीक तेंगशेर लांब धवीं (फुलां) तुरो येता. कांय जातिंनीं हो तुरो दिसना. उस १० ते १५ फूट मेरेन वाडटा.

ऊशिचो उगम न्यू गीनी हांगा जालो म्हणपाचो उल्लेख आसा. उपरांत उशिचो प्रसार पॅसिफीक राज्यांनी जालो. थंयच्यान मागीर बोर्निझो, सुमात्रा ब्रह्मदेश ह्या देशांतल्यान उस भारतांत आयलो.

मॉरीशस, चीन, गियाना, इजीप्त, ऑस्ट्रेलिया, कॅनडा, पाकिस्तान, मध्य अमेरिका, मेक्सिको, ताईवान, जावा ह्या देशांनीं उशिची लागवड मोठ्या प्रमाणांत करतात. मॉरीशस ह्या ल्हानशा देशांत सुमार ९० टक्के सुवात ऊशिचे लागवडिखाला आसा. भारत देशांत उत्तर प्रदेश, महाराष्ट्र, गुजराथ, मध्यप्रदेश, तामिळनाडू, बिदार, ओरिसा ह्या राज्यांनीं मोठ्या प्रमाणांत ऊशिची लागवड करतात. भारतांत सुमार ३१.१३ लाख हेक्टर सुवातींत ऊशिची लागवड आसा, आनी सुमार १८.७० कोटी टन उशिचें उत्पादन जाता. गोंयांत १२०० हेक्टर सुवातींत उशिची लागवड जाता, आनी ६०,००० टन इतलो ऊस मेळटा. गोंयांत सांगे, केपें, फोंडें, काणकोण, दिवचल, पेडणे, सत्तरी ह्या तालुक्यांनीं ऊशिंची लागवड करतात.

देशांतले मुखेल संशोधन तशेंच ऊस पैदास केंद्र कोईंबतोर हांगा आसा. ह्या केंद्रांत उशिच्यो जाती विकसीत करून ह्यो, देशांतल्या सुमार ५० ऊस संशोधन केंद्रांचेर धाडटात. ह्या केंद्रांचेर ह्या जातिच्या उत्पन्नाचो आढावो घेवन, मागीर त्या – त्या वाठाराखाला फाव त्या जातिची शिफारस करपांत येता. उशिची को – ७४० ही सगळ्यांत पयलीं विकसीत केल्ली जात. आजुनमेरेन ही जात शेतकऱ्यांमदीं लोकप्रिय आसा. ७५२७ ह्या जातिची गोंयांत लागवडिखातीर, शिफारस केल्ली आसा. ही जात हेक्टरी १३० टन उत्पन्न दिवपाक शकता.

ऊशिच्या पिकाक उश्ण आनी दमट हवामान बऱ्यापैकीं मानवता. उदकाचो बरो निचरो जावपी कुसकुशीत जमीन उसाक अधीक मानवता. उसांची लागवड करपाखातीर पयलीं जमीन उबीं–आडवी नांगरून ती सुमार १०–१२ दीस तापपाक दितात. उपरांत १ मीटर अंतराचेर चरयो मारतात. चरयो मारपाखातीर खोरें, पिकासाचो वापर करतात. कांयकडेन तेखातीर ट्रॅक्टराचोय वापर करतात. ट्रॅक्टराचो वापर केल्यार खर्च बरोच उणो जाता. चरयांनी शेणखत जावं कंपोस्ट घालून चरयांनी उदक दितात. उसाचे लागवडिच्यो तीन पद्धती आसात. पयली तीन दोळे पद्धत. हे पद्धतींत तीन दोळ्याचे वेणे वापरतात. दुसरी पद्धत आसा ती एक शेळो–

पद्धत. हे पद्धतींत एक दोळो आशिल्लो वेणो वापरतात. तिसरी पद्धत आसा ती पेशीजाल संर्वधीत (Tissue culture) रोपां वापरपाची पद्धत.

रोवच्या पयलीं बण्योंक (कांड) वखदान बुडोवन लायल्यार मुखार रोग कीड लागपाचे प्रमाण उणें जाता. हाकालागून बेणे लावचे पयलीं आरेटोन जावं आगेलॉल ह्या वखदाच्या उदकान बेणे दोन वरां बुडोवन दवरतात आनी उपरांत लायतात. कांय शेतकार पयलीं उदक दिवन मागीर बेणे लायतात. हिका ओली पद्धत म्हणटा, तर कांय शेतकार पयलीं बेणे लावन मागीर उदक दितात, हिका सुकी पद्धत अशे म्हणटात.

लावपाच्या वेळाप्रमाण ऊसाच्या लागवडिच्यो तीन पद्धती आसात. पयली पद्धत म्हणजे 'आडसाली.,' हे पद्धतीन ऊस जून म्हयन्यांत लायतात. हो उस तयार जावपाक १८ म्हयने लागतात. दुसरी पद्धतिचो आसा ती 'पुर्वहंगामी' हे पद्धतिचो ऊस १५ ऑक्टोबर ते १५ नोव्हेंबर ह्या काळांत लायतात. ही ऊस तयार जावपाक १४ म्हयने लागतात. तिसरी पद्धत आसा ती 'सुरू'. हे पद्धतिचो ऊस १५ डिसेंबर ते १५ जानेवारी ह्या काळांत लायतात. गोंयांत शेतकार तिसरें पद्धतिचो म्हणजे 'सुरू' हे पद्दतिचो वापर करतात. हेर राज्यांनी जंय पावसाचें प्रमाण उणें आसता, थंय तिनूय प्रकारच्या

पद्धतिंचो वापर करतात.

ऊशीक नडणेचो (अवांतर वनस्पतिचो) उपद्रव जाता. कामेऱ्यांकडसून वा मशिनावरवीं नडणी काडटात. नडणी मारपाखातीर 'येट्राझीन' हें चार किलो वखद ५०० लिटर उदकांत घालून, एक हेक्टर सुवातिचेर फवारचें. हें वखद नडणी किल्लून येवचे पयलीं मारतात. हाका लागून नडणी किल्लून येवच्या पयलींच मरता. नडणी कमी करपाक दुसरो एक बरो उपाय आसा तो म्हणजे उशेलांनी मिश्रपिकां घेवप. अशें केल्यार नडणेचो खर्चूय वाचता आनी आंतरपिकाक लागून येणावळ वाडटा. उशेलांनीं चवळी, मगू, मिरसांग मुळो, कांदो, बटाट अशीं मिश्रपिका बरेभशेन घेवपाक जाता. चवळी, मूग सारखे कड्डणाचें पीक घेतल्यार, जमनींत नत्र सांचिल्लें नत्र उसाच्या पिकाक उपकार पडटा.

ऊशिचे पीक १०-१२ म्हयन्याचें आशिल्ल्यान, पावसाचे दीस सोडून हेर काळांत दर आठ दिसांनी उदक दिवपाची गरज आसता. उदक पारंपारीक पद्धतीन शिपणेन वा ठीबक पद्धतीन वा फवारो सिंचन पद्दतीन दिता.

ऊशिच्या पिकाक हेक्टरी २५० किलो नत्र, १२५ किलो, स्फूरद, तशेंच १२५ किलो पलाशाची गरज आसता. हीं अन्नद्रव्यां वरसायनीक जावं सेन्द्रिय साऱ्याच्या रुपांत दितात. हीं अन्नद्रव्यां एकूण चार फावट विभागून दितात. अशें केल्ल्यान ऊशीक सारो तेंप जमनिंतल्यान अन्नद्रव्यां मेळटा.

ऊशिच्या पिकाक दोन फावट मातयेची भर दितात. पयली भर तीन म्हयन्यानीं, दिता तिका बाळभरणी वा हलकी भरणी म्हणटात. दुसरी मोठी भरणी म्हणटात ती ५-६ म्हयन्यांनीं करतात. भरणी करचें पयलीं उशीक सारें दितात. भरणी घातिल्ल्यान ऊस वाऱ्यान पडपाचें प्रमाण उणें जाता. वाऱ्यापासून ऊशिकांडे जमनिचेर पडचे न्ही म्हण, ऊशिची बांधणी करतात. चार ते पांच ऊस एकिकडे करून ते बांदतात.

ऊशिचें पीक १०-१२ म्हयन्यानीं तयार जाता. कोयत्यान वा मशिनावरवीं ऊशीकापणी करतात. कापणी करताना ऊस मुळासकट कापिना. मुळाकडेन जमनिवयल्या कांडाचो कांय भाग दवरता. ह्या उरिल्ल्या भागाक खोडवो म्हणटात.

एकदा ऊस कापतकच तीन फावट ताचो खोडवो दवरून उत्पादन घेवपाक जाता.

पयली कापणी जातकच ऊशीक उदक दिता. तशें खोडव्यांक कोंब फुट्टात. १०-१२ म्हयन्यांनीं हो ऊस परत तयार जाता. अशे २-३ फावट खोडव्यांपासून ऊसाचें पीक घेव मेळटा. ते उपरांत ऊस मुळासयत काडून त्या जाग्यार नवीन लागवड करतात. गोंयांत उशिचे सरासरी हेक्टरी ५० टन उत्पन्न मेळटा, हेर राज्यांच्या तुळेन हें खुपूच उणें आसा. बरी मशागत केली तर हेक्टरी १३० ते १५० टन उत्पन्न घेवप सहज शक्य आसा. ऊशीक तरेकवार रोग तशेंच किडिंपासून उपद्रव जाता. म्हत्वाच्यो रोग आनी किडी अशो :

ऊसमर : हो रोग बुरशिपासून जाता. पयलीं ऊशिच्या पेराकडेन कॉफी रंगाचे दाग दिसतात. आनी मागीर ऊस मरपाक लागता. रोगाआड बेणे लायतनाच उपाय घेवप गरजेचें. केण्याक 'ॲगेलोल' ह्या वखदांत बुडोवन काडीत जाल्यार ह्या रोगाची लागण जावपाक पावना.

काणी : ह्या रोगांची लागण जाल्यार ऊशिची वाड सारखी जायना. ऊशिच्या तेंगशेकडल्यान एक चाबकासारखी काळी वादी भायर सरता. हो रोग योवपाक जायना म्हण ऊशीचे बेणे लायतना गरम उदकान बुडोवन लायतात. अशें केल्ल्यान ह्या रोगाचे

जिवाणू मरतात.

गवती वाढ : हो एक वायरसापासून जावपी रोग आसा. ह्या रोगाची लागण जाल्यार उस तणाभशेन वाडटा. तांकां कांड येना. ह्या रोगाचेर मात करपी कांय जाती विकसीत केल्ल्यो आसा. ह्या जातिचो वापर केल्यार हो रोग येवपाक पावना. तशेंच केण्यांक गरम उदकाची प्रक्रिया केल्यारूच हो रोग जावपाक पावना.

ऊस तांबडो जावप : ह्या रोगाक 'रेड रोट' अशे म्हणटात. हो रोग लागत जाल्यार ऊशिचें कांड भितरल्यान तांबडें जाता. कांय शेतकार ह्या रोगाक 'ऊशींत कोळो पादला' अशें म्हणटात. ह्या रोगाचो आनी कोल्याचो कसलोच संबंद ना. पारोयूक्त वखदाचो बेणे लायताना वापर केल्यार ह्या रोगाची लागण जावपाक पावना.

ऊसाक किडिंपासून कांय प्रमाणान उपद्रव जाता.

खवलां कीड : ही कीड ऊशिच्या पेराचेर तशेंच नवीन कोंब येता थंय, खवल्यांभशेन पातळटा. आनी ऊशिचो रोस चोखता. हाकालागून ऊशिचें साखरेचें प्रमाण कमी जाता आनी ऊस सुकपाक लागता. हे किडिची लागण जावं नये म्हण 'डायमिथोयेट' वखदान बेणे बुडोवन लायतात.

लोकरी मावा : हीं हालिंतेंपार ऊसाक उपद्रव करपाक लागिल्ली कीड हे किडिची एकदां लागण जाल्यार तिचेर आळाबंद हाडपाक खूप कठीण आसता. धविंफूल्ल अशो ह्यो किड्यो पानांचेर तशेंच कांडाचेर रावून रोस चोखता. ऊस लायतना बेणे अशा जाग्यावयल्यान हाडटात. जंय हे किडिची लागण जाल्ली ना. हे किडीक खावपी आनीक कांय किडी आसात, ह्यो किडी ऊसाच्या मळ्यांत सोडल्यार लोकरी मावा किडीक खावन उडयतात.

उपेग : ऊशिच्या सगळ्या भागाचो उपेग जाता. ऊस जेन्ना कापतात, तेन्ना तेंगशे वयलो पाचवो भाग कापून तो गोरवांक खावडीक वापरतात, सुकिल्ल्या पानांचो कंपोस्ट खत तयार करपाक उपेग जाता.

ऊशी कांडपाचो मुखेल उपेग म्हणजे साखर कारखान्यांत व्हरून तांच्यापासून साखर तयार करतात. दुसरो उपेग म्हणजे ऊसापासून गॉड तयार करप, आनी तिसरो उपेग म्हणजे ऊशीकांडे चरकांत पिळून पिवपाखातीर रोस तयार करप. सुमार ८०–९० टक्के ऊस हो साखर करपाखातीर वापरतात. ८ टक्के ऊस गॉड करपाखातीर, जाल्यार १–२ टक्के ऊस रोस काडून पिवपाखातीर वापरतात.

भारतांत सुमार ३५० साखर कारखाने आसात. चडशे कारखाने उत्तर प्रदेश आनी महाराष्ट्र राज्यांनी आसात. गोंयांत फकत एकच साखर कारखानो आसा. गोंयांत तयार जावपी ऊस, ह्या कारखान्याक पावना, देखून महाराष्ट्र तशेंच कर्नाटक राज्यांतल्यान ऊस हाडून ह्या कारखान्यांत साखर तयार करता. १० टन ऊशिपासून १ टन साखर तयार जाता.

ऊशिचो रोस काडून जातकच जो चोथो उरता ताका बगास (Bagesses) अशें म्हणटात. हाचेपासून 'स्पिरीट' तयार करतात. चोथ्यापासून कंपोस्ट खत तयार करपाक जाता. चोथ्यापासून 'मोलेसीस' नांवाचो पदार्थ मेळटा, हो गोरवाचें खावडीक वापरतात.

तुळशी लग्नाच्या दिसा तुळशींत ऊस लावपाची प्रथा आसा. कारवार भागांत तुळशिच्या लग्नादिसा ऊशिचो वापर करून तुळशी मुखार आरस करतात. तुळशी लग्नाक ऊशी कांडाचे कुडके प्रसाद म्हणून वांट्टात. कर्नाटकांत निवेदाचे पंचखाद्यें उशी–

कुडके घालतात. तशेच दसऱ्या–दिवाळे सारख्या सणांदिसांनी उशी–कांडे दारामुखार तशें वाहनांक बांदतात. कामीण जाल्ल्या मनशाक ऊशी–रोस दिता. गांवांनीं निखट्या दांतानीं ऊशित–कांडो चाबून रोस पिवपाची चाल आसा. अशें केल्ल्यान दातांची चकाकी तशेंच घटसाण वाडटा. गोंय धरून कोंकणांतल्या जात्रांनीं ऊशिकांडे विक्रेक दवरतात. लोक घरा वतना खाजें, चणे सारकिल्ल्या पदार्थांवांगडा देवा पांयाकडचो प्रसाद म्हणून ऊशी कांडोय व्हरतात. भारतांतल्या सगळ्या प्रदेशांनी ऊशी कांडे चरकात पिळून ताचो रोस विकपाची वेवस्था आसता. साखर, खडिसाखर, गॉड आनी काकय हे ऊशिपासून तयार जाल्ले पदार्थ हे गोडखाणां तयार करपाक गरजेचे आसता.

– विश्राम गांवकार

एकीक : मुतूंक वचपाक परवानगी मागपाची कुरू. सार्वजनीक सुवातेचेर, जय लोकांचो समुदाय आसता थंयसून मुतूंक वचपाक जाय तेन्ना समुदायाच्या मुखेल्याक वा समुदायाकच उद्देशून ही परवानगी मागप जाता. ती मागताना मागपी उबो रावून आपल्या हाताची पयलीं चार बोटां कवळून निमाणें करंगळिचें बोट उबें करपाची कुरू करता.

एकीकचो चड वापर शाळेंतल्या विद्यार्थ्यांकडसून जाता. वर्गांत शिक्षक शिकयताना वा हेर शिक्षणीक कार्यावळ चलताना, मदींच खंयच्याय विद्यार्थ्यांक मुतूंक जालें तर तो विद्यार्थी उबो रावून एकीकाची कुरू करून शिक्षकाची परवानगी घेता.

तोंडान सांगिनासताना कुरु करून परवानगी मागपा फाटलीं दोन कारणां दिसता. मुतूंक वचप ही क्रिया आजूनय तशी खाजगी क्रिया मानप जाता जाल्ल्यान, तिचो चार चौगांमदीं तोंडांतल्यान उच्चार करप ना असो सामाजीक संकेत आसा. हें एक कारण. दुसरें कारण म्हणजे कसलीय कार्यावळ चलताना मदींच तोंडी परवानगी मागल्यार कार्यावळीक बाधा येवं येता म्हणून मोनेपणान कुरु करपाची पद्दत आयल्या आसूं येता.

शाळेंतले कांय तवनास भुरगे, हेर कारणांखातीर भायर वचचें जाल्यार आनी ते खातीर शिक्षक परवानगी दिवचो ना म्हणून कळल्यार, एकीकची कुरू करून म्हणजे फटिचें कारण सांगून भायर वतात आनी हे कुरवेचो दुरुपयोग करतात. संडासाक (परसाकडेन) वचपाची परवानगी मागताना वेगळे तरेचे कुरू करतात. ह्या वेळार आखाण्यातेंकुनचीं दोन बोटां (दुसरें आनी मदलें) उबीं करून बाकिचीं तीन बोटां कवळून दवरतात. हे क्रियेक 'दोकीक' म्हणटात.

– सं. मं.

एन्. दत्ता : गोंयचो नामनेचो संगीत रचनाकार. ताचे नाव दत्ता नार्वेकार आसा. जेन्ना तो मुंबय गेलो तेन्ना ताणें मुंबय चित्रपटसृष्टींतलो महान संगितकार एस्. डी. बरमन हाच्या खाला संगीत सहाय्यक म्हूण काम केलें. हे वेळार साबार चित्रपटांखातीर संगीत रचपाक ताणें बरमनदा हाका मजत केली. दत्ताक क्रांतिकारी गीतां आवडटालीं, म्हणून गीतकार साहीर लुधीयानवी हाच्या क्रांतिकारी गीतांनी तो खुबूच प्रभावीत जाल्लो. 'मिलाप' (१९५५) ह्या

हिंदी चित्रपटाचे दिग्दर्शक राज खोसला हाणें जेन्ना दत्ताक चित्रपटाखातीर संगीत रचपाक संद दिली, तेन्ना ताणें गीतकार साहीर हाका गीतकार म्हणून घेवचो असो आग्रो केलो. हाचो परिणाम म्हणून 'ये बहारों का समा'... (हेमंत,लता), 'जाते हो तो जाओ. पर जाओगे कहाँ...'' (गिता), आदी चित्रपट गीता संगीतबद्ध जालीं. 'मिलाप' ह्या ताणें संगीत बद्ध केल्लीं गीता इतकीं गाजलीं की अशे तरेन ह्या फिल्मी दुनियेंत एक संगितकार म्हूण ताचें नांव जालें. दत्ताच्या उच्च दर्जाच्या संगितकलेचो पुरावो म्हून ताणें

एन्. दत्ता (दाव्या वाटेन)
महम्मद रफी (उजवे वटेन)

संगीत बद्द केल्लीं. जीं गीतां अजरामर जाल्यात ती अशीं आनी मन भुलोवण्यो 'सितारें राह तकते हैं...' (लता), 'ब्लेक कॅट' चित्रपटांतलें 'मैं तुम्ही से पुछती हूँ...' (लता), 'औरत ने जन्म दिया मरदों को...' (लता), 'साधना' चित्रपटांतलें 'सँभाल – इ – दिल...' (आशा – रफी), 'चंद्रकाँता' चित्रपटांतलें 'मैं चाँद और सितारों कि तमन्ना कि थी...' (रफी), 'चाँदी कि दिवार चित्रपटांतलें 'अश्कों में जो पाया है... (तालत),' 'लाईट हाऊस चित्रपटांतलें 'किस जगह जाए...' (आशा), 'मारिन ड्राईव्ह' चित्रपटांतलें 'अब वो करम करें...' (रफी), 'दामन में दाग लगा बैठे...' (रफी), 'धूल का फूल' चित्रपटांतलें 'तेरे प्यार का आसरा चाहता हूँ...' (महेंद्र), 'धरमपूत्र' चित्रपटांतलें 'आज कि रात नहीं शिकवों...' (महेंद्र) आनी 'मिस्टर एक्स' चित्रपटांतलें 'लाल लाल गाल' 'दत्ता नायक' हे चित्रपटाकूय संगीत ताणेंच दिलां. ४४ हिंदी चित्रपटांक आनी २८ मराठी चित्रपटांक ताणें संगीत दिलां.

एन. दत्ता हाचें खाशेलेपण म्हणजे उण्यांत उणीं वाद्या (ऑर्केस्ट्रा) वापरून गीतांतल्या अर्थाक आनी भावनेक चडांत चड परिणामकारक करपाचे कसब ताका सादिल्लें.

– सं. मं.

एन. शिवदास : एन. शिवदास हाचें नांव शिवदास सोनू नायक. ताचो जल्म १७ मार्च १९४९ दिसा नागेशीं, फोंडें हांगा जालो.

ताचें मुळावें शिकप मराठिंतल्यान नागेशीं भवानी शाळेंत जालें. तशेंच पुर्तुगिजींत इश्कोल प्रायमर हातूंत जालें. एस. एस. सी. मेरेनचें शिकप इंग्लिशिंतल्यान फोंडेच्या आल्मेदा हायस्कुलांत जालें.

उपरांतचें पदविमेरेनचें शिकप इंग्लिशिंतल्यान मडगांवच्या चौगुले महाविद्यालयांतल्यान जालें. ताणें इंग्लीश साहित्य घेवन एम. ए. केल्या. पत्रकारितेचो कोर्सय केला. वेवसायान तो शिक्षक.

कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय चो वांगडी. गोवा कोंकणी अकादेमिचो दोन फावटीं उपाध्यक्ष,

उप्रांत अध्यक्ष, कोंकणी लेखक संघाचो संस्थापक अध्यक्ष तशेंच दक्षीण सेंट्रल रेल्वे, वेस्ट झोन कल्चरल सेंटर, उदयपूर, साहित्य अकादमी, नवी दिल्ली (कोंकणी सल्लागार मंडळ, २००२-२००७), गोंय राज्य सांस्कृतीक उदरगत संस्था, राजभास संचालनालय, फोंडेच्या राजीव गांधी कला मंदिराचें साहित्यीक मंडळ आनी शिक्षक कल्याण मंडळ अशा साबार संस्थाचो वांगडी म्हणून काम केलां.

कोंकणी लघुकथा, कोंकणी साहित्यांत सामाजीक आनी ग्रामीण जिणेचें पडबींब, भुरग्यांचें साहित्य अशा विविध विशयांचेर पेपर बरोवन बेंगळूर, कोचीन, मंगळूर आनी गोंय अशा वाठारांनी आयोजीत केल्ल्या राष्ट्रीय परिसंवादानी ते सादर केल्यात. १९६९ सावन काँग्रेस पक्षाकडेन संबंद. दक्षीण गोंय जिल्हा काँग्रेस समितिचो सरचिटणीस, गोंय प्रदेश काँग्रेस समितिचो सचीव. गोंय विलिनिकरणाच्या विरोधांत (१९६६-६७) सहभाग, कोंकणी प्रजेचो आवाजाच्या भाशीक आंदोलनांत (१९८७) म्हत्वाची भुमिका. देवळें खुली करा ही सामाजीक चळवळ (१९८३) सुरू केली. दिवाडेच्या जुंव्यार शेतकरी चळवळ (१९९०) सुरू केल्या.



'पणजी' आकाशवाणीवेल्यान कथा, नाटकुलीं प्रसारीत. राष्ट्रमत, सुनापरान्त, वर्तमान, पुढारी, नवप्रभा, गोमंतक ह्या दिसाळ्यांतल्यान लेख प्रकाशीत. गोंय दूरदर्शनावयल्यान डोक्युमेंटरी, मुलाखती, टेलिफील्म हांचे प्रसारण. मराठी, हिंदी, इंग्लीश भाशेंतल्यान कथा अणकारीत जावन उजवाडाक आयल्यात. तांच्या कथांचो शालेय तशेंच महाविद्यालयीन पाठ्यपुस्तकांत आस्पाव जाला. ताची आयजमेरेन १२ पुस्तकां प्रकाशीत जाल्यात. 'पिसांट' (नाटक) - १९७४, 'फोरेन जांवय' (नाटक) - १९८०, 'बंड' (नाटक) - १९८५, 'गळसरी' (कथासंग्रह) - १९७३, 'भांगरसाळ' (कथासंग्रह) - २००३, 'देवळां उकतीं करात' - (सामाजीक लेख), 'देवळे खुली करा' - (मराठी), 'नकलामी' (कादंबरी) - १९८८, 'भगदाड' - (मराठी कादंबरी) - २००६.

ताणें महाराष्ट्रांतल्या कांय भागांनी तशेंच कोलकाता, कोचीन, केरळ, हरयानी, राजस्थान, दीव, दुबय आदी वाठारांनी भोंवडी केल्या.

ताणें जोडिल्ले पुरस्कार आनी भोवमान - 'गळसरी' आनी 'भांगरसाळ' हांकां गोवा कला अकादमी, राज्य पुरस्कार (१९८२ आनी २००४) एन. सी. ई. आर. टी. चो बाल साहित्य पुरस्कार. (१९९८-९९) 'गळसरी' आनी 'नकलामीं' हांकां कोंकणी भाशा मंडळ, गोंयचो पुरस्कार, (२०००) त जनगंगा साहित्य पुरस्कार. टी. एम. पै फावंडेशनचो 'महारूख' हाका उत्कृष्ट साहित्यीक पुरस्कार (२००२) 'भांगरसाळ' हाका साहित्य अकादमी, नवी दिल्ली चो पुरस्कार (२००५). गोंय राज्य कला आनी संस्कृती संचालनालयाचे वतीन रंगसन्मानावरवीं भोवमान (२००७).

- श्रीमती हेमा नायक

एरणाकुळम (एर्नाकुलम्) : केच्ची कोर्परेशनाचें राजपटण. केरळांतल्या चवदा जिल्ल्यांतलो एक जिल्लो. १ एप्रील १९५८ वर्सा हो जिल्लो घडोवन हाडलो. ह्या जिल्ल्यांत आलुवा, परवूर, कोच्ची, कणयन्नूर, कुन्नत्तुनाड, कोतमंगलम्, मूवाट्टुपुषा, प्रदेश आसात. ह्या जिल्ल्यांत दोन मुखेल न्हंयो आसात. एक पेरियार आनी दुसरी मूवाट्टुपुषयार. ह्यो न्हंयो एरणाकुळम जिल्ल्याच्या वेवसायाच्या विकासांत आपलें योगदान दीवन आसात. इतिहासांत प्रसिद्ध जाल्ले मलयाट्टूर, कालडी, आलुवा प्रदेश पेरियार नदिचे करावळीक आसतात. एरणाकुळम शाराच्या जलमार्गात हे न्हंयेचो वांटो मुखेल आसा. हाचे भायर वेंबनाट्टकायल बी जलमार्गाक पालव दीवन आसा.

ह्या जिल्ल्याचें क्षेत्रफळ २४०८ चौ. किलोमीटर आसून तो भुगोलीक नदरेन उंचप्रदेश, सपाट प्रदेश आनी किनारी प्रदेश अशा तीन वाठारांनी आस्पावला. ताचे दक्षिणेक कोट्टायम जिल्लो, उत्तरेक त्रिशूर जिल्लो, पश्चिमेक अरेबीयन समुद्र आनी पुर्वेक इडुक्की जिल्लो आसा. जिल्ल्याची लांबाय सुमार ४८ किलोमीटर आसा. एरणाकुलम जिल्लो विमान (कोची विमानतळ), रेल्वे (एरणाकुलम आनी कोची स्टेशनां), बोट (कोची बंदर) आनी रस्तो (नॅशनल हायवेज) अशा येरादारी सुविधांनी देशाच्या हेर प्रदेशांक जोडिल्लो आसा. ह्या जिल्ल्याच्या भुगोलीक सुवातीक लागून, आनी विशेश करून उदका-येरादारिचे सुविधेक लागून, आदल्या काळांत अरब, चिनी, डच, ब्रिटीश आनी पुर्तुगीज लोकांचो ह्या प्रदेशाकडेन वेपारी संबंध खूप आसलो. लोकसंख्या ३,१०५,७९८ आसा.

एरणाकुळम शारांत हिन्दू, मुसलमान आनी क्रिस्तांव वसाहत करून आयल्यात. हांची देवस्थानां बी हांगा आसात. हिन्दू देवस्थानांत पूर्णत्रयीश क्षेत्रम् (तृप्पूणित्तुरा), श्रीकृष्णक्षेत्रम् (रविपुरम), तृक्काक्कर वामन क्षेत्रम् (तृक्काक्करा), कोट्टक्कोविलकम क्षेत्रम् (चेन्नमंगलम), श्रीकृष्णक्षेत्रम् (वेळ्ळारप्पळ्ळि), वेंकटाचलपति क्षेत्रम् (मट्टांचेरी आनी एरणाकुळम) प्रमुख आसात. हाचें भायर एरणाकुळम, आलुवा, तिरुवाळूर, उळियन्नूर, उदयंपेरूर, पाळूर, तृक्कारियूर, तिरुमाराडि, चेन्नमंगलम प्रदेशांत शिवाची देवळां आनी चोट्टानिक्करा, वेळ्ळारपिळ्ळि, ओणक्कूर, मट्टांचेरी, नायरंबलम, पुत्तनकाव, प्रदेशांत देवीचीं देवळां आसतात. एरणाकुशम प्रदेशांतलें हनुमान देवूळ, परवूरचें मूकांबिका देवूळ, मूषिक्कुळम प्रदेशांतलें लक्ष्मणाचें देवूळ भो प्रसिद्ध आसा. मलयाट्टूर, आरक्कल, चेन्नमंगलम, उदयंपेरूर, वल्लारपाडम, काञ्जूर, कोतमंगलम, कोच्ची, कोलंचेरी प्रदेशांत क्रिस्तावालीं देवालयां आसात. म्ट्टांचेरी, जूतभागम्, काञिरमट्टम, करिक्कोड प्रदेशांतलीं मुस्लीम देवालयां बी प्रसिद्ध आसात.

एरणाकुळम जिल्ल्यांत अनेक वेवसाय चलतात. एलूर प्रदेश ह्या वेवसायांचें केंद्र आसा. हाचे भायर जिल्ल्यांत हांगा थंय ल्हान वेवसाय आसात. समुद्राचे करावळीक लागून एरणाकुळम जिल्लो नुस्तें धरपा खातीर प्रसिद्ध आसा. चेल्लाणम, फोटकोच्ची, कण्णमाली, मरुवक्काड, मालिप्पुरम, ञारक्कल, नायरंबलम, पळ्ळिप्पुरम, मुनंबम प्रदेशांत तरातराचें नुस्ते मेळटात. 'अरबिक्कडलिन्टे राणी' (अरब सागराची राणी) म्हण प्रसिद्ध कोच्ची बंदर ह्या जिल्ल्याच्या वेपाराच्या विकासांत व्हड योगदान दिता. रेल्वे मार्ग हांगा वेपार सोय करून दिता. एरणाकुळम एक पर्यटन केंद्र बी आसा. भोंवडेकारांक

आकर्शण दिवपाचे अनेक प्रदेश ह्या जिल्ल्यांत आसात. कालडी शंकराचार्याली जल्मभूंय, आलुवा प्रदेशांतलो अद्वैताश्रम भोंवडेकारांलो आवडेचो. मलयाट्टूर क्रिस्तांव भोंवडेकारा खातीर भो आकर्शक आसा. बोळघाटी जुंवो सगळे वाटेन भोंवडेकाराक आकर्शीत करता.

एरणाकुळम जिल्ल्याक हें नांव दिल्लें खातीर एक कथा आसा. पोरण्या कालाक 'देवालन' म्हण एक मनीस गुरुशापाच्या कारणान सर्पमनीस जालो. ताका मागीर नागर्शि म्हण नांव जालें. ताणें तपस्या करून शिवाचो अनुग्रह घेतलो. ज्या प्रदेशांत ताणें तप केलें तो प्रदेश 'ऋषिनागक्कुळम' म्हण प्रसिद्ध जालो. हातुंतल्यान एरणाकुळम नांव जालें म्हण एक मत आसा. दुसरें मत 'इरैनारकलम' (शिवालें स्थान) ह्या उतरांतल्यान एरणाकुळम जालें म्हण सांगता. एरणाकुळमांतल्या तिरुमलदेवस्थानांत आशिल्ल्या आयदनांचेर 'पञ्चब्जपुरम' म्हण हाच्या नांवाची बरपावळ आसा. हाचे भायर कोंकणी भाशेंत एरणाकुळम प्रदेशाक 'अंचिक्कम्मळ' म्हण वळखतात. हें नांव अठराव्या शेकड्यांतले सरकारी कागद-पत्रांचेर बरयल्लें आसा. हाची व्युत्पत्ति मलयाळम 'अञ्जु कैमळ' उतरांतल्यान जाली. पोरण्या कालाक पांच कैमळ एरणाकुळमाचें शासन करताले. देखून हें नांव पडलें. एरणाकुळमाचो इतिहास णव ते बारावे शेंकड्या मेरेन महोदयपुरम (आयचें कोडुङ्ङल्लूर) प्रदेशांत शासन केल्ले कुलशेखर शासकांचो इतिहासय जावन संबंद दाखयता. ताचें उपरांत हो प्रदेश कोच्ची राज्याच्या अधिकारा खाला आयलो.



हिल पॅलेस म्युझियम

ई. १९५८ वर्सा एरणाकुळम जिल्ल्यांत कोच्ची प्रदेशाच्या मुखेलपणान नवी पद्दत सुरू जाली. कोच्ची कोर्परेशनाचे वांगडा पेरुंबावूर, उत्तर परवूर, आलुवा आदी नगरपालिका आशिल्ल्यो. आज एरणाकुळम विकासाचे वाटेर मुखार सरून आसा. हांगा अनेक शिक्षण संस्था, म्हाविद्यालयां, मेडिकल कॉलेज आनी इंजिनियरींग कॉलेज जाल्यात. भलायकिचे नदरेंतल्यान पळयल्यार अनेक हॉस्पिटलां हांगा कार्य करतात. वैप्पीनकरा, वाषक्कुळम, अंगमाली, पारक्कडव, आलङ्ङाड, परवूर, मूवाट्टुपुषा, कोतमंगलम, पांबाक्कुडी, कुन्नत्तुनाड, कूवप्पडी आदी प्रदेशांत विकासाचें कार्य चलून आसा. कोच्ची कोर्परेशन आनी दुसरीं सात नगरां हातूंत आस्पावून आसात.

साहित्याच्या आनी कलेच्या कार्या संबंदान एरणाकुळम जिल्लो मुखार सरून आसा. समस्त केरळसाहित्यपरिषद, केरळचरित्रसमिती, केरळा फाइन आर्ट्स सोसाइटी, केरळकलापीठम, केरळ हिन्दी प्रचार सभा एरणाकुळमांत कार्य करतात.

एरणाकुळम आनी कोच्ची प्रदेशांत कोंकणी समाज व्हड संख्येन रावता. एरणाकुळमांत ह्या समाजांतले अनेक सदस्य उच्च पांवड्यांचेर आसात. कांय जाण

वेपारी, दुसरे दोतोर आनी वकील. एरणाकुळमांत महाराजास कॉलेजाची स्थापना करूंक कोच्ची रायाक प्रेरणा दिल्ले तिरुमलदेवस्वम अधिकारी आर. एस. हरि शणै हांगेलें नांव हांगा उल्लेखनीय आसा. के. नरसिंह पै एरणाकुळम महाराजात कॉलेजाचे पयले प्रिन्सिपल आनी शिक्षणाचे संचालक बी आशिल्ले. बँकाच्या मळार गोविन्द प्रभु हांगेलें योगदान म्हत्वाचें आसा. कोडुङ्ङल्लूर श्रीकृशणस्वामी देवळाचे ते स्थापक आशिल्ले. हाचें भायर कोडुङ्ङल्लूर प्रदेशांत एम. एन. वामन पै, डॉ. एस. आर. अच्युताननदन, एम. एन. गोविंन्द प्रभु, राम पै, हांची नांवां उल्लेखनीय आसा. एरणाकुळम प्रदेशांतल्या शेणाय्स थियेटराचो धनी आनी वेपारी श्रीनिवास शणै, इंडियन चेंबर आफ कामेर्स हाचो अध्यक्ष आनी भांगराचो वेपारी सुन्देरेश पै, ताचो बापूय सदानन्द पै, गौड स्वारस्वत म्हासभेचो अध्यक्ष आनी परमळीक द्रव्यांचो वेपारी टी. एम. वी. शैणै, चोट्टानिक्करा पडियार मेम्मोरियल होमियोपथीक मेडिकल कॉलेजाचो पूर्व प्रिन्सिपल एस एन पडियार, आयुर्वेद दोतोर श्रीनिवास कामत बी अंचिक्कम्मळ वापरून आशिल्ले मान्य व्यक्ती. श्री सुधीन्द्रा मेडिकल मिशन, श्री सुकृतीन्द्रा ओरियन्टल, रिसर्च इन्स्टिट्यूट एरणाकुळमांत आशिल्ल्या गौड सारस्वत ब्राह्मणसमुहाच्यो मुखेल संस्था, हांगा धर्मीक, सामाजीक आनी शैक्षणीक कार्य चलून येता.

ह्या जिल्ल्यांत जायतीं प्रेक्षणीय थळां आसात. अरेबियन समुद्राची राणी म्हणून नामना आशिल्लें कोची शार, डच राजवाडो (१५६८), कोचीनचो किल्लो थलसिरो किल्लो, ज्यू प्रार्थना मंदीर, कथकली केंद्र, कोदंड, मंगलवनम, सँट फ्रांसीस चर्च धट्टेकड पक्षी अभयारण्य, परिक्षीत संग्रहालय, विलींगटन जुंवो, अट्टुकल भगवती देवूळ (मुडीपुरा) आनी थंयचो अट्टुकल पोंकाला उत्सव, चेट्टीकुलांगर देवी देवस्थान (कयामकुलमीन अलाप्पुझा) आनी थंयचो भरणी उत्सव, मन्नारशाला देवस्थान (हरीपाद) आनी थंयचे सुमार ३०,००० नाग प्रतिमा आदी. ओणम, भरणी, अट्टाचामायम, कोची कार्निवाल, इंदिरागांधी बोट रेस, ज्यू - उत्सव, कंजिरामट्टम उत्सव, चायनीज नुस्तें जाळे, हीं हांगाचीं खास आकर्शणां आसात.

– डॉ. एल्. सुनिताबाय

एरंड : (मराठी – एरंडी, हिंदी – अरंड, गुजराती – तिर्की, कन्नड – हरळ्, संस्कृत – एरंड, इंग्लीश – कॅस्टर ऑइल प्लँट, लॅटीन – रिसिनस कम्युनिस).

सुमार ३.५ मी. उंचायेचो हो रूख. पोरन्या लिखाणांत ह्या झाडाक 'चित्रविजा', 'पंचागुल' आनी 'वातारी' हीं नांवां मेळटात. झाडाच्या आकारावेल्यान वा तांच्या गुणधर्मावेल्यान हीं नांवां ह्या झाडाक पडल्या आसूं येता. पानां हाता आकाराच्यो आनी पानांचेर आशिल्ल्या पांच शिरांवेल्यान पंचांगुल हें नांव पडलां. ह्या रुखाचें कांड खुसखुशीत आसता. पानां हाता आकाराचीं, एकामेका–सावन वेगळायल्लीं, कांटेरी खांचीं आशिल्लीं आनी लांब देंठांचीं आसतात. पानांच्या पोंदा, देंठांचेर आनी कांडाचेर गोबरी सया आसता. रुखाच्या पोंतार डिसेंबर–मार्च म्हयन्यांत उब्या तुऱ्याचेर एकलिंगी पाचवीं फुलां येतात. पु–पुष्प सकयल्या भागांत आसता आनी स्त्रीपुष्प वेल्या भागांत आसता. ताचें फळ (पालिभेद) त्रिपुटक (trilocular) आनी बोंड कांट्यारें आसता. ताका घट्ट, लांबशीं, पिंगशीं आनी विंगड विंगड तिबे आशिल्ली बी आसता.

बियेच्या एका तोंकाक ल्हान बिजोपांग आसता. तांबड्या रंगाचो दुसरो एक एरंडाचो प्रकार सोबेखातीर पोरसांत लायतात. ह्या रुखाचें कांड, देंठ, शिरो, फुलां हे भाग तांबडे आसतात. एरंडाच्यो बियो रेचक आसतात आनी तांचे तेल (एंडेल) कृमी सारक (जंतुंचो नाश करपी) आनी भलायकेक गुणकारी आसून हास्तिरोग, आंकडी ह्या रोगांचेर तें उपेगी पडटा. ह्या तेलांत केरोसीन १:७ प्रमाण मेळोवन तें जळणाक वापरतात. हेर तेलांपरस ह्या तेलाचो उजवाड बरो पडटा. घड्याळी निवळ करपाक आनी यंत्रां सदळ जावपाखातीर ह्या तेलाचो वापर करतात. शाबू, मेणवाती, वासाळ तेलां, कापूर रंगोवप, छापप, नायलॉनचे धागे तयार करप, कातड्यांचे उद्येगधंदे, हातूंतय तेलाचो उपेग करतात. एरंडाची पेंड एक बरें सारें म्हूण वापरतात. ही पेंड पिकांतली वाळटी, किडिंचो नाश करता. एरंड ह्या रुखाचो दरेक भाग वखदी आसता. मुळां दाहक आनी वातनाशक आसतात. सूज येवप, जोर, दमो, खांक, मूत्ररोग हांचेर ताचीं मुळां उपेगी पडटात. आंगार दूद चड जावंचें म्हूण एरंडाचीं पानां हून करून थानांचेर बांदतात वा तांचो काडो करून पितात. पानांचो रोस गोरवांक खावयल्यार तांचेय दूद वाडटा. गाठ, मुळव्याध, पित्तांशय ह्या सारक्या रोगांचेर एरंडाचीं फळां उपेगी पडटात. आदल्या काळांतले लोक

नेमान वर्साक एक–दोनदां एंडेल घेताले. ल्हान भुरगीं ताची रुच, वास आनी गिळगिळीत स्पर्श हांकां लागून तें घेवपाक विट्टालीं. तेखातीर तांकां एंडेल दितांना तें म्होंव, चा वा तत्सम पेयांतल्यान दिवप जातालें. जीं भुरगीं एंडेल घेवपाक न्हयकार दितालीं तांचें तोंड बळ्यां उक्तें करून तांच्या दाडमणामदीं कसली वस्त दवरून एंडेल तांच्या ताळ्यांत रकयताले. भुरग्याच्यो तें ना घेवपाखातीर हुयेल्यो आनी ताका तें बळयां दिवपाची जाण्टेल्यांची ताचे हात–पांय धरून रावपाची कसरत जावन, ती एक घरांतली खाशेली कार्यावळ कशी जाताली. एंडेल घेतल्याउप्रांत बरेच फावट पातळ परसाकडेन जावंन पोट साफ जातालें. तेचवांगडा हागून हागून जीव थकतालो. ते खातीर दनपारचें जेवण बरें नुस्त्याचें करताले. खंयचोय वैजकी उपचार करचे पयलीं जाणकाराचो सल्लो घेवप गरजेचें आसा.

– सं. मं.

एशियाटीक सोसायटी ऑफ मुंबय : संस्कृताय, इतिहास, शास्त्रां, कला, साहित्य हांच्या साधनांचें संपादन आनी संवर्धन करपाच्या उद्देशान ब्रिटीश काळांत मुंबयत स्थापन जाल्ली एक संस्था. मुंबयचो गव्हर्नर डंकन हाचे प्रेरणेन, सर जॅम मॅकिंटॉश

हाच्या फुडारपणाखाला २६ नोव्हेंबर १८०४ दिसा, 'लिटररी सोसायटी ऑफ बाँबे' ह्या नांवान ती पयलीं सुरू जाली. एल्फिस्टन, माल्कम सारख्या विद्याप्रेमी शासकांनी आनी अस्किन, बॉडेन, मुर, ड्रमंड, कॅ. बेसिल हॉल सारखिल्या विद्वानांनी फुडाकार घेवन, चर्चा, वाचपघर, पुराणवस्तुसंग्रहालय, नाणक संग्रह, वेधशाळा, प्रयोगशाळा, नियतकालिका अशे उपक्रम सुरू करून हे संस्थेक लोकांमदीं प्रिय केली.

अशीच एक संस्था कलकत्त्यांत १७८४ त सर विल्यियम जोन्स हाणें 'एशियाटीक सोसायटी ऑफ बेंगॉल' स्थापन केली. तेच धर्तेर मद्रासांतय अशी एक संस्था सुरू जाली. १८२३ त लंडनांत सुरू जाल्ले 'रॉयल एसियाटीक सोसायटी ऑफ ग्रेट ब्रिटन आनी आयर लँड' संस्थेक भारतांतल्यो सोसायटी संलग्न जावंन तांकां हे मध्यवर्ती सोसायटिचे फांटे समजप जालें. 'एशियाटीक सोसायटी ऑफ बाँबे' ही संस्था १८३० त ते मध्यवर्ती संस्थेक संलग्न जावंन तिका 'बॉम्बे ब्रँच ऑफ रॉयल एशियाटीक सोयायटी' हें नांव प्राप्त जालें. १८७३ 'बॉम्बे ज्योग्राफिकल सोसायटी' आनी १८९६ त 'अँथ्रॉपोलोजीकल सोसायटी ऑफ बॉम्बे' तिच्यांत सामील जाल्यो. स्वतंत्रताये उप्रांत, १९५४ त तिचें 'एशियाटीक सोसायटी ऑफ बॉम्बे' अशें नामकरण जालें आनी उप्रांत बॉम्बेंचेंच 'मुंबय' नामकरण जातकर २००३ त आतां हे संस्थेचें 'एशियाटीक सोसायटी ऑफ मुंबय' अशें नव्यान नामकरण जालें. १९३० त सोसायटीक मुंबयच्या टावन हॉलांत सुवात मेळेली.

सुर्वेक हे संस्थेचो कारभार युरोपियन शासक आनी विद्वानांकडेन उरलो तरी उप्रांत बालशास्त्री जांभेकर, डॉ. भाऊ दाजी लाड, डॉ. भगवानलाल इंद्रजी, न्या. तेलंग, डॉ. पां. वा. काणे हांच्या सारखिल्या भारतियांनी आपलें योगदान



दिल्लें आसा.

सद्याक संस्थेकडेन दोन लाखावयर ग्रंथ संग्रह आसून तातुंतलीं सुमार १५,००० ग्रंथ हे दुर्मीळ तशे मोलादीक आसात. हातूंत १९४७ वर्सा मुंबय प्रांतीक सरकारान दिल्ल्या ३० हजार ग्रंथांचो आस्पाव आसा. प्राकृत भाशेंतलीं सुमार ३००० दुर्मीळ हस्तलिखितां आसात.

संस्थेंत उपलब्ध आशिल्ले कांय दुर्मीळ ग्रंथ १) दान्ते आलगैरी हाणें १४ व्या शेकड्यांत बरयल्ल्या, 'धी डिवायन कॉमेडी' (The deveine Comedy) ह्या बरपाचें मूळ दोन हस्तलिखितांमदले एक हस्तलिखीत. हें हस्तलिखीत, तेन्नाचो मुंबयचो गव्हर्नर माऊंट स्टू आईट एलफीन स्टोन आनी सोसायटिचो अध्यक्ष (१८१९-१९२७) हाणें सोसायटीक दिल्लें. ताचेर ताची सय आसा. २) संस्कृत ग्रंथ : वासु पुज्य चरित (१२ वो शेंकडो) हें जैन तिर्थनकार वासु पुज्य हाचे जिविताचेर आदारिल्लें पुस्तक. ३) १८५३ प्रसिद्ध जाल्लें 'फिरोदोसीचो शंतरनामा' हें पर्शियन भाशेंतलें पुस्तक. ४) १६ व्या शेंकड्यांतलें साम लिपयेंतले 'अरण्यकपवन' हे हस्तलिखीत.

सोसायटिची वास्तू टॉवन हॉल ही एक अप्रतीम वास्तू शास्त्राची निर्मिती आसून तिचेर ग्रीक तशें रोमन वास्तूशास्त्राचो व्हड प्रभाव आसा. आठ दोरीक पद्दतीचे खांबे आशिल्लो प्रवेशदारांतलो सोंडवो, टॉवन हॉलामेरेन वचपाची ३१ सोपाणांची माळ आनी लोखणी आवरणाचें सोप्यामेरेनचें अस्तित्व हीं हे वास्तूचीं खाशेलिंपणां आसात. वास्तूक आतां दायजी वास्तू म्हणून मान प्राप्त जाला.

– जे. बी. मोरायस

ॲन्सेस्ट्रल गोवा : गोंयचें, खाजगी वेवस्थापनासकयलें एक वस्तुसंग्रहालय हें संग्रहालय, दक्षीण गोंयच्या लोटली ह्या गावांत आसा. ९ एकर उक्ते सुवातीचेर पाताळिल्ल्या ह्या संग्रहालयाक एक आगळें अशें आकर्शण प्राप्त जाला. महेंद्र आल्वारीस ह्या कलाकारान ताची सप्टेंबर १९९५ त उभारणी केली. गोंयचे सांस्कृतीक दायज, फुडले पिळगेचे माहितीखातीर सांबाळून दवरपाच्या उद्देशान ह्या संग्रहालयाची निर्मिती जाल्ल्या.

ह्या संग्रहालयाचें खाशेलेपण म्हणजे निखटी आदल्या वस्तीचीं मांडावळ हो हांगा उद्देश दवरूंक ना. सबंध संग्रहालय म्हणजे २०० वर्सां पयलिचो एक गाव कसो उभारला आनी तेन्नाच्या गांवच्या सामाजीक, सांस्कृतीक, कुटुंबीक वेव्हाराचें जशाक तशें दर्शन घडयलां. तेवेळची घराची मांडावळ, घरांतल्यो वस्तू, गांवांतलो तिटो (बाजार), खुरीस, गोठो, तणा गुडें, काजू – फेणी – भाटी, सोऱ्याचें दुकान (तावेर्न), भुसारी पसरो, दवरणें हाची नीट – नेटकी आंखणी केल्या. त्या काळांतले गांवचे वेवसायीक, नुस्तेकार, नुस्तेकान्न, नाल्ली सोलपी, मातये आयदनां करपी कुमार, मेस्तकाम करपी मेस्त, फुलां विकपी फुलकान्न, पाटले करपी पाटलेकान्न, कांकणां विकपी कांकणकार, भाजिल्ले चणे विकपी चणेकार, व्हाणो करपी चामार, केंस मारपी म्हालो, संगीत वाजोवपी संगीतकार, शेतांत काम करपी शेतकार, पापड करपी पापडकान्न, गोरवां राखपी राखणो तांच्या आवतां सयत मनशाचे उंचायेच्या आकाराच्या बावल्यांनी दाखयल्या.

हाच्याच सांगाताक कलेच्यो वस्ती विक्री – केंद्र, सुकणीं – प्रदर्शन, उदका झरे, फळां – आनी



मिराबाईचें पुर्णाकृती शिल्प

मसाल्याचें वट्ट, वखदी वनस्पत – पोरसू, हस्तकला – केंद्र, पुस्तक – कोठी हांचीय थंय निर्मिती आसा.

बीग फट आनी संत मिराबाई ह्यो दोन लॅटरायट फातरांत कोरायल्यो दोन कलाकृती हें ह्या संग्रहालयाचें खाशेलें योगदान आसा. 'बीगफूट' (व्हडलें पावल) ही कलाकृती एके आख्यायिकेचेर आदारून आसून, जो कोण त्या पावलार उबो रावून नितळ मनान जें मागतलो तें ताका प्राप्त जातलें असो समज आसा. मिराबाईच्या पुर्णाकृतिचें शिल्प हें १४ मिटर लांब आनी ५ मीटर रूंद आसून, हें ग्रोको – रोमन पद्दतीचें शिल्प महेंद्र आल्वारीस हाणे निर्माण केलां. हाचेर गंदारा घराण्याचो असर आसा. ह्या शिल्पाचें म्हत्त्व लक्षात घेवन ताची लिम्का बुकांत लेटरायट फातरांत कोरायल्लें सगळ्यांत लांब शिल्प म्हणून नोंद जाल्या.

– सं. मं.

ॲलापे : उकडे तांदूळ, फोव, सोय, तूप, काजू बियांचे कुडके, मेथी, गॉड, रूची पुरतें मीठ आनी खावपाचो सोडा घालून केल्ल्या ह्या पदार्थाक ॲलापे म्हणटात.

ॲलापे करपाचो खाशेलो तवो आसता. ह्या

तव्याक मर्दी वाटये आकाराचीं कशीं मिलां आसतात. हो ॲलाप्याचो तवो भिड्या सारक्या धातू पसून तयार करतात. आदल्या काळार हो तवो चडकरून वापरताले. सगळेंच आधुनीक जाल्ल्यान, खावप कमीय जाल्ल्यान, ॲलाप्याचेर विसर पडिल्ल्यान, आतां अशीं आयदनां पळोवंक मेळना. पूण हालिसारां कांय दुकानांनी तशेंच घरांनीय ॲलाप्यांची आयदनां दिसपाक लागल्यात खरीं, पूण तीं भिड्या सारको धातू वापरून तयार केल्लो तवो न्हय, तर ते नॉन स्टीक तवे आसतात.

ॲलापे करपाची रीत अशी : एक वाटी उकडे तांदूळ रातचे भिजत घालचे. तातूंत पाव चमचो मेथी घालची. दुसरे दीस सकाळींच एक मूठभर फोव धुवून मातशें दवरचें. उपरांत तांदूळ, फोव, पाऊण वाटी सोय, घालून बारीक वांटून घेवचे. (चड पातळ करचें न्हय) त्या मिश्रणांत रूची पुरतें मीठ, अर्दी वाटी गॉड, काजुबियांचे कुडके, घालून एक करचें. म्हळ्यारूच चाळून घेवचे. हें मिश्रण इडल्यांच्या पिठा इतलें दाट आसचें.

गॅसार ॲलाप्याचो तवो दवरचो. तवो तापतकच प्रत्येक मिलांत थोडें तूप घालून कुलेरान ॲलाप्यांचे मिश्रण तातूंत घालचें. वयल्यान धांकणे धांपचे. पांच मिनटांनी हें ॲलापे सुरयेच्या तोंकान परतुचें. जाय जाल्यार आनी इल्लें तूप घालचें. दोनय वटेच्यान तामसार जातकच काडून घेवचे. (मध्यम गॅसाचेर तवो दवरचो) सकाळीं वा सांजवेळार च्यायेबरोबर हे ॲलापे खावचें. बरोबर जाय जाल्यार चटणी आनी सॉस लावन खावचें.

– सं. मं.

ओंट : पळयात : वोंट

ओंडो : एका प्रकारचें थडें. हें थडें गुण्यांचे राशिच्या रुपांत उबें आसता. एखादी नावाजती व्यक्ती जेन्ना मरता तेन्ना ताका फोंडांत पुरल्याउप्रांत त्या फोंडाचेर, तेवटेन आयिल्लो गेल्लो, त्या फोंडार एक गुणो उडोवन वता. असो गुणो उडोवप हें ते मेल्ले व्यक्तिचो आदर करप अशें समजता. तशेंच, तशें केल्ल्यान ते व्यक्तिची आनी ताणें केल्ल्या कार्याची याद करप जाता. आदल्या काळांत अशीं ओंड्याच्या रुपांतलीं यादस्तिकां जळीं मळीं दिसतालीं. कामुर्ली (बार्देस गोंय) गांवांत रावजी राणे (१८९०) ह्या त्याकाळच्या झुजाऱ्याचो असोच एक ओंडो (फोंड) आसा.

– सं. मं.

ओंपार (म्हण, गाद): भौसाचें अणभवी शाणेंपण दोखोवपी माणकुलें अशें वाक्य म्हणजे 'म्हण', म्हण्णी वा ओंपार. 'म्हण' म्हळ्यार अणभव केंणायल्लें लोकमंत्र. म्हणितलें शाणेंपण काव्य आनी ताल आशिल्ल्या अुतरांनी बांदलेलें आसता म्हणून म्हण कानार पडनाफुडें मनांत कोरांतून दवरता. मतींत धरता आनी जिबेर घोळयता. हे म्हणिचेर डॉक्टर जॉन्सन हाणें मत मांडलां, 'A proverb is a short Sentence Frequently repeated by the people'.

म्हण ही लोकवेदाचो एक मौखीक साहित्यप्रकार. यमक आनी अनुप्रास सादून, उपमा, अलंकार घालून गिन्यान भरून घेतिल्ली सुटसुटीत अशी काव्यात्मक वाक्यरचना. कर्नाटकांत म्हणीक 'गादी' म्हणटात. 'आदगत' हेंय उतर म्हणीक पर्याय म्हूण वापरतात. आजो मारप वा आण्यांनी उलोवप अशेय म्हणटात.

म्हण ही मनिसकुळा–इतली पोरणी. जी जाणवाय मनशान जोडल्या, ती ताणें तोंडा–तोंडी धाकट्या धाकट्या वाक्यांनीं दुसऱ्यां मनशांमेरेन पावयल्या. ओपारीन मनीस मनशाक फकाणांनीं आनी चिंमट्यांनी शिटकायता. पंचतंत्र आनी हितोपदेश ओपारिंनीं ओतिल्लो दिश्टी पडटात.

खंयच्याय भाशेंतल्यो म्हणी भास उलोवपी लोकांनी घडयल्ल्यो वा दुसऱ्या भाशेंतल्यान आपणायिल्ल्यो आसात. कोंकणी समाजाचें भेस बरें चित्रण कोंकणी म्हणिंतल्यान जाता. कोंकणी मनशांची आनी प्रदेशांची अस्मिताय तातुंतल्यान पारखूंक मेळटा. म्हणिंचीं दोन आंगा आसात. एक सकारात्मक (Positive) आनी दुसरें नकारात्मक (Negative). हीं दोनूय आंगां कितें करचें आनी कितें करचें न्हय हें सांगता.

जिणेंतल्या तरेकवार खिणांचो दिश्टावो म्हणिंतल्यान जाता. म्हणी ह्यो समाज मनाच्यो दिसपट्ट्या वेव्हारांतल्यो प्रतिक्रिया जाल्ल्यान, म्हणिंतल्यान संसाराच्या दर एका आंगाचेर भाश्य केल्लें दिश्टी पडटा.

दर एका ओंपारींक वा म्हणींक त्या त्या गांवचो वास मारता. एका गांवची ओंपार दुसऱ्या गांवांत वताना जशाक तशी वचना. ती त्या त्या गांवचो संदर्भ घेता.

देखीक. 'शेणिल्लें गोरूं करमळेच्या तळ्यांत' ही म्हण गोंयच्या करमळच्या तळ्याचो संदर्भ घेता. तर ह्याच आशयाची 'शेणिल्लो फकीर मशिदींत' ही म्हण फकीर आनी मशिदी वांगडाच मुसलमान समाजाचो संदर्भ घेवन येता. तशेंच 'शेड्ड्याची धांव वंयमेरेन' ही कोंकणांत घोळपी म्हणिचो आशय सांगपी 'सुंगटाची उडी धोंपरामेरेन' ही म्हण केरळांतल्या सुंगटाचो संदर्भ घेता. तशेंच 'रागार जाल्ल्या जांवयाची धांव दरवट्या मेरेन' ही म्हण वेगळो संदर्भ घेवन, तोच आशय व्यक्त करता. अशेतरेन संदर्भ बदलीत एक म्हण गांव बदलीत आसता. वा अशेंय जावपाची शक्यताय आसा. मनशाचे अणभव जशे वैश्वीक तशो ताच्यो प्रतिक्रियाय वैश्वीक जाता. अशा वैश्वीक प्रतिक्रियांच्या रुपांत जल्माक आयिल्ल्या म्हणीकय वैश्वीक रुप मेळूंक पावता. समान अणभव, प्रादेशीक प्रतिकां घेवंन, स्वतंत्रपणान वेगवेगळ्या प्रदेशांनी जल्माक योवप सभावीक आसा.

कांय कोंकणी म्हणी :

१) फुलू खुस्तार खोजने : दुसऱ्याच्या पयशांनीं फोल्गां मारप.

२) मोडक्या खुरसाक चेपें कोण काडिना : मनीस दुबळो जातकीर ताचो मान राखिना.

३) दोडयाऱ्या तकलेंत तीन फातर : एकेका मनशाचें नशीबच फुटके आसता.

४) ते फिरंगी गेले, ते उंडे गेले : मनशाप्रमाण कामाचो दर्जो आसता.

५) बाप्पाय ना आनी पुडवेंय ना : जेन्ना दोनयकडेन शेणटा तेन्ना.

६) फातर्पेच्यान गोंय लागीं : जेन्ना गरज नासताना पयसुल्ल्यान वा अवांतरपणान वेव्हार/प्रवास करता तेन्ना.

७) वडे काडटल्याचो शेंबूड काडूंक जाय : गरजवंताक गरज भागयतल्याचें कसलेंय काम करचें लागता.

८) मेजावयलें केळें काडून फिर्याद जोडप : दुसऱ्याच्या खुस्तार उदार जावप.

९) बापूय करता पाप, पूत दिता जाप : बापायच्या

वायट कर्माचीं पुताक वायट फळां मेळटा.

१०) हांडीर चेडो आनी सोदता सगळो वाडो : कसलोय उपाय लागीं आसताना तो सोदपाक गांवभर भोंवप.

११) कावळ्या दोळो तंवशाचेर, माजरा दोळो भोपशाचेर : कांय लोकांचो मतलबी वेव्हार आसता.

१२) गणेश पुजेक कुसको नाल्ल : कामाचे सुरवातीकच आडखळ जावप.

१३) उंदराक माल्ल्यार गणपतीक राग येता. कोणाकय दुखोवचे पयलीं ताच्या संबंधितांचो विचार करूंक जाय.

१४) नडणी कशीय जावं, कण्णो बरो हालूंक जाय : काम करपा परस कामकरपाची ऐट चड दाखोवप.

१५) पाद्रिलो शेर्मांव व्हनयेक न्ही : दुसऱ्यांक देखी दिवप आपणेन त्यो मानप ना.

१६) वारें येता तशें सूप धरप : जाचेपासून फायदो जाता ताचें हय म्हणप.

१७) माकडा हातान कोलती : गिन्यान नाशिल्ल्याच्या हातांत अधिकार दिवप.

१८) खणटल्याक पेज आनी न्हिदतल्याक शीत. काम करतल्याक उणो मोबदलो आनी काम ना करतल्याक चड मोबदलो दिवप.

१९) नडटलो नडटा आनी मेरेवयलो पिरंगता : काम करपी खोशयेन काम करता, ताका पळोवपी वोगीच निर्शेता.

२०) देखलें मर्डे, आयलें रडें : दिसता तितक्यापुरतो हुस्को करप.

२१) दोळ्यां आड, मसण पाड : आपणाक खबर ना ताचो हुस्को करप ना.

२२) घरासारको सोयरो, सोयऱ्यासारकें घर जायना. घराचे परिस्थितिप्रमाण सोयऱ्यान बदलूंक जाय. सोयऱ्याचे परिस्थितिप्रमाण घर बदलूंक शकना.

२३) गाबत्याक गोरवां आनी भटाक तारवां कोणेन सांगल्यां? : जाचें काम ताणेंच करूंक जाय.

२४) जानवें घालें म्हण बामण जायना : भायल्या भेसापरस मान मेळपाक तशी कुवत जाय.

२५) सूर रोंट मेळटा थंय देवचार ओडटा : जाचेकडेन आस्पत आसा ताचें लोक आयकतात.

२६) मिसाक गेलीं आशेन, मीस जालें फिरंगी भाशेन : जेन्ना धार्मीक गजाली परकी भाशेंतल्यान जाता तेन्ना सामान्य मनशाची अडचण जाता.

आकर्शक उतरांनी आनी मनोरंजनात्मक आशयान, संसाराचें गिन्यान आनी वा नैतीक शिकवण दिवप हो म्हणिंचो मुखेल उद्देश आसा. म्हणी हो गांवगिऱ्या लोकांचो मौखीक वाङ्मय प्रकार आशिल्ल्यान, कांय म्हणिंतल्यो उपमा, प्रतिकां आनी दृश्टांत पोजडें दिसले तरी, थंय पोजडेंपणाचें दर्शन घडोवचे परस, म्हणी लोकाभिमूख करपाचो हेत दिसता.

एका काळार म्हणिचो वापर दिसपट्ट्या वेव्हारांत व्हड प्रमाणांत जातालो. जाण्ट्यां मनशांच्या तोंडार त्यो उतरांपावलाक घोळटाल्यो. अशिक्षीत मनशांखातीर म्हणी म्हणजे गहन विशयाचें गुपीत तत्त्वगिन्यान सांगपी सोपी पद्दत आसली. आदल्या लिखीत साहित्यांतय म्हणिंचो बरोच वापर जातालो. आधुनीक काळांत, लोकांचे जिबेर तशें साहित्यांत म्हणिंचो वापर व्हडलोसो जाल्लो दिसना. काळाचे गरजेप्रमाण नव्या विशयांवयल्यो नव्यो म्हणी तयार जायना. म्हणिनी म्हणजे आडवाटेन विशय समजुचे परस, आधुनीक सुविधांवरवीं सरळ विशय समजून

घेवपाची लोकांची मानसिकता वाडल्या म्हणून अशें जाता जावंचे तरीय आधुनीक काळाचो संदर्भ घेवंन कांय म्हणी निर्माण जाल्यात. नव्या म्हणिंच्यो कांय देखी :

१) घरोघरी मातयेच्च्योच चुली : घरोघरीं गॅसाच्च्योच शेगडी.

२) नकटिच्या लग्नाक सतराशें विघ्नां. : नटिच्या लग्नाक सतराशें विघ्नां.

– सं. मं.

ओंवळ : पळयात : वोंवळ

ओंवो : पळयात : वोंवो

ओझारियो, एरिक : (जल्म : १८ मे १९४९ – मंगळूर)

कोंकणी जानपद जाणकार, कोंकणी संगीत संयोजक आनी कोंकणी संघटक. हाच्या बापायचें नांव प्रोस्पेरो आनी आवयचें नांव बेर्न डेट्टा. तांच्या धा भुरग्यांतलो एरीक सातवें भुरगें. कोडियाळचें (मंगळूर) सँट जोसेफ स्कूल, कासिया हायस्कूल, सँट आलोसियेस हायस्कूल हांगा शिकलेउप्रांत ताणें सँट आलोसियेस कॉलेजिंतल्यान वाणिज्य शाखेंतली पदवी घेतली.

कोंकणी जानपद आनी कोंकणी संगिताच्या मळार ताणें कार्य केलां. तें करपाखातीर ताणें नावाजत्यो अशो संस्था निर्माण केल्या. त्या संस्थांवरवीं कोंकणी संगिताच्या माध्यमांतल्यान कोंकणी अस्मितायेचो संदेश देशांत आनी देशाभायर पावयला. कोंकणी सांस्कृतीक संस्था 'मांड सोबाण' आनी 'कलांगण' ह्यो संस्था स्थापूंक आनी तांचो वावर चलोवंक ताणें मोलादीक सहकार्य दिलां. तेभायर कर्नाटक सरकाराचे कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकादेमीचो तो अध्यक्ष (२००५–८) आसलो. पयल्या विश्व कोंकणी संमेलनाचे सांस्कृतीक समितीचो अध्यक्ष, कॅनरा कोंकणी कॅथोलीक्स विश्व संमेलनाचो सहसंचालक आसलो.



कोंकणी भास, संस्कृती, संगीत लोकांमेरेन पावोवपाच्या उद्देशान ताणें कलांगणावतीन कोंकणी लोकांचो राबितो आसल्या भारतांतल्या विंगड प्रदेशांनीं ७५ दीस 'भोंवडी यात्रा', करून ६७ सुवातींनी सांस्कृतीक कार्यावळी केल्या. तेचपरी 'कोंकणी दायज दिव्य यात्रा' आयोजीत करून सुमार म्हयन्यांभितर सुमार धायेक हजार घरांक भेट दिल्या. तेभायर गल्फ देशांनी आनी भारतांतल्या हैद्राबाद, मुंबय सारकिल्ल्या प्रदेशांनी सुमार शंभरावयर सांस्कृतीक कार्यावळी सादर केल्यात. ताच्या मार्गदर्शनाखाला स्वरचीत तशे हेर मेळून जानपद संगिताचे १५ आल्बम उजवाडाक आयल्यात. तशेंच



कलांगण

मांडोउत्सव (२००३) बैला (संगीत प्रकार) प्रथम उत्सव (१९८८) बैला इंटरनेशनल (१९८९) अशे साबार संगितोत्सव ताणें यशस्विपणान आयोजीत केल्या. १७११ गायकांचे ४४ पंगड घेवन सतत ४० वरां कोंकणी संगिताची कार्यावळ 'कोंकणी निरंतरी' करून गिनीज बुकांत कोंकणी संगिताचो रिकॉर्ड नमूद करून दवरलो. (जानेवारी २००८).

ताणे स्थापीत केल्ली 'कलांगण' ही संस्था कोंकणी सांस्कृतीक मळावयली आनी देश-विदेशांत कोंकणी कलेचें दर्शन घडोवपी एक नावाजती संस्था. हें संस्थेंत उक्तो रंगमंच, दायज-संग्रहालय, प्रशिक्षण केंद्र आनी हेर सुविधा आसात. नव्या तशें प्रस्थापीत कलाकारांक आपली कला लोकांमुखार सादर करपाक कलांगण संद दिता. कलांगणाच्या म्हयन्याळे संगीत सभेंत, कर्नाटक, महाराष्ट्र, केरळ, गोंय आनी हेर प्रदेशांतल/या कलाकारांनी आपली कला सादर केल्या. कलेसंबंधीं हेर उपक्रमय हांगा चलतात.

लोकवेद परंपरेचो सोद घेवन लिखीत आनी दृश्य माध्यमांतल्यान ह्या सोदाचें सादरीकरण करच्या उद्देशान 'मांड सोबाण' (जानपद संगीत प्रयोग), गुमट सोबाण (जानपद संगीत साधनेचे पुनुरुत्थान), माटोव नृत्य (कोंकणी नाच कलेचे पुनुरुत्थान), बुर्ग्यांलें सोबाण (शिशु गीत) स्थापन ताणें केलां. ताच्या वावराखातीर ताका कर्नाटकराज्य पुरस्कार (१९९३), भारत सरकाराचें वरिश्ट कलाविद शिश्य वेतन (२०००-०२), विश्व कोंकणी कला रत्न (१९९९), संदेश प्रतिष्ठान पुरस्कार (१९९३), कर्नाटक कोंकणी साहित्य पुरस्कार (१९९९), मस्कत, ओमनचे 'बरपी मित्र पुरस्कार' (२००३) कोंकणी कला सम्राट, कोंकणी सांस्कृतीक रायबारी अशे पुरस्कार मेळल्यात. २०१० वर्सा, मंगळुरा पयलें विश्व कोंकणी सांस्कृतीक संमेलन ताच्या फुडारपणा खाला जालें.

– डॉ. जयवंत नायक

ओडियर, बचण्णा (बचण्णराय) वसंत माधव : आदले मुस्तिंतलो गोंयचो राज्यपाल वसंत माधव हाचो धाकलो पूत. १३९६ वर्सा, नरहरी मंत्री हाच्या उपरांत तो गोंयचो राज्यपाल जालो. बनवासी हांगासल्ल्या देवळामुखार एका शिलालेखांत ताचें वर्णन केल्लें आसा ते अशें : 'श्रीवसंत माधवरायर कुमार श्रीमन्महामंत्रीश्वर रंगिणीप्रतापगिरीदुर्गमल्ल कोंकण प्रतिष्ठाचार्य आत्रेयगोकुलोद्भवन् अह बाचण्णरायरु गोवापुराधीश्वर कदंबराजसिंहासनधिष्ठितन् आत्रि सुखसंकथाविनोदडिं राज्यं गेथ्पुत्त इर्दलि चंद्रगुति बनवासे कोंकण रंगिणी मोदलाद मस्त राज्यवनु प्रतिपालसुत्ते विद्दलि.'

इ. स. १३९९ वर्साच्या मकरवळ्ळीच्या एका लेखांत गोंयच्या शिंवासनार बसून हरिहररायाचो प्रधान वीर बचण्णा ओडियर गोंयचो कारभार चलयतालो, तेन्ना मकरवळ्ळी गांव थंयच्या नृसिंह देवाक दान दिलो असो उल्लेख आसा. ताचें कारकिर्दींत ताणें रंगिणी (रांगणा) आनी ताचें दक्षिणकडलो वाठार आपले सत्तेखाला घेवन कोंकण दिग्विजयाचें माधव मंत्री हाचें सपन खरें केलें.

– सं. मं.

ओडियर, वसंत माधव : आदले मुस्तिंतलो गोंयचो राज्यपाल. ताचें आडनांव वागळे आसलें. ताचें गोत्र अत्री. तो कुठ्ठाळचो गांवकार आसलो. ताचो पयलो उल्लेख इ. स. १३७९ वर्साच्या एका शिलालेखांत मेळटा. तातूंत तो चिक्करायाच्या हाताखाला आरम – मुत्तीचो सुभेदार आसलो, असो उल्लेख आसा. विजयनगरच्या राजान गोंय राज्य घेतकच माधव मंत्री हाणें गोंयचो राज्यपाल म्हण काम केलें.

१३७९ वर्सा माधव मंत्री हाचें उपरांत वसंत माधव हाची ताच्या जाग्यार नेमणूक जाली. फुडें आठ वर्सां वसंत माधव हाणें गोंयचो कारभार पळेलो. माधव मंत्रीक गोंय घेवपाक, ताणें आनी भाई शणै वागळे हाणें पालव दिल्लो तशेंच गोंयाचेर घुरी घालपाक ताका आपयल्लो अशें इतिहासकारांचे मत आसा. ताका हरिहररायाचें प्रधानपद मेळिल्लें आनी तो आपल्या नांवा मुखार 'गोवापुराधिश्वर' अशी पदवी लायतालो, अशें शणै गोंयबाब हाणें, 'गोंयकारांची गोंयाभायली वसणूक' ह्या पुस्तकांत बरोवन दवरलां.

इ. स. १३९६ वर्साच्या एका शिलालेखांत ताका 'गोवापुराधिश्वर' अशी पदवी लावन, दुसऱ्या हरिहराचो महाप्रधान, मुसलमान सैन्याक हारोवपी (तुरकदळवि भांडक), सपाकोंकण, धुळिपट्ट कदंब – सुरेकार कदंबपुरजन प्रतिपालक, श्रीवीर वसंतमाधवराय अशें ताचें वर्णन केल्लें आसा.

१३८७ वर्सा, वसंत माधव हाचें उपरांत ताचो व्हडलो पूत मलप्पा ओडियर गोंयचो राज्यपाल जालो.

– सं. मं.

ओणवो दवरप : पळयात : आंगठे धरप

ओपिनीयन पोल (सार्वमत) Opinion Poll : गोंय, दमण आनी दीव ह्यां प्रदेशांतल्या नागरिकांक आपलो राजकीय फुडार थारावपाखातीर

केंद्र सरकारान दिल्ली एक संद. १६ जानेवारी १९६७ दिसा जाल्ल्या ह्या पोलांत गोंय, दमण आनी दीव च्या अधीकृत नागरिकांखातीर स्वतंत्र राजकीय अस्तीत्त्व (संघप्रदेश), कांय गुजरात (दमण आनी दिवाखातीर), महाराष्ट्र (गोंया खातीर) ह्या शेजाराच्या राज्यांत विलिनी करण अशा दोनच पर्यायांचेर, पक्ष विरहीत सार्वत्रीक मतदान करपाची संद दिल्ली. ह्या मतदानाचो १९ जानेवारी १९६७ दिसा निकाल जावन भोवसंख्य नागरिकांनीं गोंय, दमण आनी दीव ह्या प्रदेशांक शेजारच्या राज्यांत विलीन जावपाआड मतदान करून तिनय प्रदेशांखातीर स्वतंत्र राजकीय अस्तित्वाचो (संघप्रदेशाचो) निर्णय घेतलो. ह्या इतिहासीक मतदानांत विलिनिकरणाखातीर 'फूल' तर स्वतंत्र अस्तित्त्वाखातीर 'दोन पानां' हीं वेंचणूक चिन्नां आसलीं.

१९ डिसेंबर १९६१ त गोंय, दमण आनी दीव हे पुर्तुगीज सत्तेखाला आसले भारतीय प्रदेश स्वतंत्र जातकर भारतीय संघराज्यांत ह्या प्रदेशांच्या राजकीय अस्तित्त्वाचो प्रस्न मुखार आयलो. हो प्रस्न जसो त्या त्या, प्रदेशाचो आसलो तसो तो राष्ट्राचो राष्ट्रीय प्रस्न जालो. गोंयची भुगोलीक सलगता, भाशीक आनी कांय प्रमाणांत सांस्कृतीक लागसारपण आनी आर्थीक संबंध ह्या मुद्यांचेर महाराष्ट्र राज्यान गोंय स्वतंत्र जायत सावन गोंयाचेर आपलो राजकी हक्क सांगलो. ह्याच मुद्यांचेर दमण आनी दिवचेर गुजरात राज्याचो हक्क उरूंक लागलो. मदीं भुगोलीक सलगता आनी इतिहासीक दायज हे मुद्दे घेवन कर्नाटक राज्यानय (तेन्नाचें म्हैसूर राज्य) गोंयाचेर आपलो राजकीय हक्क सांगपाक सुरू केलें. गोंयांत मराठी परंपरा मानपी लोकांनीं, (चडशे हिंदू) हो भावनीक विशय करून, गोंयचें महाराष्ट्रांत विलिनीकरण करपाक आपलो तेंको उक्तो केलो. पारंपारीक उच्च वर्गीय म्हाजनी पिडा-पिडेंतल्यान थाकाय मेळटली ह्या विस्वासांतल्यान भौसान (भोवजनान) मराठी आनी महाराष्ट्राचो आधार घेवपाचें थारयालें, हो सामाजीक संघर्शाचो पदरय विलिनीकरण वाद्यांच्या विचारांत आसलो, अशें बऱ्याचजाणांचें मत आसा. दमण आनी दिवांत परिस्थिती खुपूच वेगळी आसली. थंय लागीं लागीं स्वतंत्र अस्तित्वा अर्दान लोकांचें स्पश्ट मत आसलें. तेभायर गोंयांत जसो महाराष्ट्र सरकार आनी मराठी विचारवंतांनी विलिनिकरणाचो नेट धरिल्लो तसो थंय गुजरात सरकार वा गुजराथी लोकांनी धरूंक नासलो. गोंयच्या संदर्भांत कर्नाटक सरकाराचोय व्हडलोसो आग्रो नासलो.

हे फाटभुयेंर गोंयांत स्वतंत्र कोंकणी अस्मितायेचो साक्षात्कार जाल्लो, गोंयच्या फुडारासंबंधी वस्तुनीश्ट आनी वेव्हारीक विचार करपी विजनरी लोकांचो पंगड तयार जालो. गोंयचो फुडार थारावपी गोंयचो राजकारभार गोंयकारांच्याच हातांत बरो जातलो. तेखातीर गोंयकार समर्थ आसात. ताणें हें आपलें सामर्थ्य गोंयांत, भारतांत तशें संसारभर वेगवेगळ्या मळांचेर सिद्ध केला. गोंयकारांच्या राज्याचें सपन पळोवपी ह्या विचाराच्या लोकांनी विलिनिकरणाक खर विरोध केलो.

१९ डिसेंबर १९६१ दिसा गोंयची मुक्तताय जाले उप्रांत ०९ डिसेंबर १९६३ दिसा विधानसभा आनी लोकसभेखातीर गोंय दमण आनी दीव हांगा पयली वेंचणूक जावंन गोंयचें महाराष्ट्रांत विलिनीकरण जावच्या उद्देशान निर्माण जाल्ल्या 'महाराष्ट्रवादी गोमंतक' पक्षाक ३० सुवार्तिंमदल्यो १४ सुवाती मेळल्यो तर विलिनिकरणाक विरोध करपी युनायटेड गोवन्स पक्षाक १२ सुवाती मेळल्यो २ अपक्ष वेंचून आयले आनी दमण सांवन काँग्रेस पक्षाक एक सुवात मेळली.

पयलेच वेंचणुकेंत जोडिल्ल्या जैतान महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षाक आनी ताच्या महाराष्ट्रांतल्या समर्थकांक नैतीक बळगें प्राप्त जावन, ताणें विलिनिकरणाच्या प्रस्तावाक नेट हाडलो. २२ जानेवारी १९६५ दिसा गोंयचे विधानसभेंत गोंयचे महाराष्ट्रांत विलिनिकरण करपी एक खाजगी थाराव पास केलो. १० मार्च १९६५ दिसा महाराष्ट्र विधानसभेंतय असोच एक थाराव पास जालो. दुसरेवटेन १२ आनी १५ मार्च १९६५ दिसांनी कर्नाटक विधानसभेंत गोंय कर्नाटक राज्यांत विलीन करपाचो

थाराव पास जालो. ह्या सगळ्या घडामोडिंचो गोंयचें स्वतंत्र अस्तित्व राखपाचे उद्दीश्ट दवरिल्ल्या युनायटेड गोवन्स पक्षान आनी ताच्या समर्थकांनीं खरपणान आपलो निशेद परगटायलो.

प्रादेशीक राजकारणांत ह्यो परस्परविरोधी मागण्यो जायत आसल्यो आनी ते करपी लोक केंद्र सरकाराचेर दबाव हाडीत आसले तरी, सामकें सुर्वेक सांवन केंद्रीय नेतृत्वान गोंयच्या स्वतंत्र राजकीय अस्तित्त्वांचेंच समर्थन केल्लें दिसता. १९ डिसेंबर १९६१ त गोंय स्वतंत्र जायना फुडें तेन्नाचे प्रधानमंत्री पं. जवाहरलाल नेहरू हांची प्रतिक्रिया ताची गवाय दिता. भारतीय संघ राज्यांत गोंयांकडेन आशिल्लें ताचें खाशेलेंपण सांबाळप जातलें अशें ताणें जायते फावट जाहीरपणान सांगलां. ०७ एप्रील १९६४ त पं. नेहरू हांचे यजमानके खाला जाल्ले काँग्रेस संसदीय मंडळाचे बसकेंत गोंय धा वर्सां मेरेन केंद्रशासीत प्रदेश म्हणून उरचो आनी उप्रांत गोंयचो फुडार थारावपाची संद गोंयकारांकच दिवची, अशी थारावणी जाली. मुखार प्रादेशीक आनी केंद्रीय राजकारणांत गोंयचो प्रस्न घोळत राविल्ल्यान गोंयचो राजकीय फुडार बेगीन निश्चीत करपासारकी परिस्थिती निर्माण जाल्ल्यान गोंय धा वर्सां केंद्र शासीत प्रदेश उरचो हें आदले थारावणिचेर पुनर्विचार करचो अशें केंद्र सरकाराचें आनी काँग्रेस पक्षाचें मत जावंन १३ सप्टेंबर १९६६ दिसा गोंयचो राजकीय फुडार ओपिनीयन पोलावरवीं थारावची थारावणी काँग्रेस संसदीय मंडळान घेतली. आनी तशी केंद्र सरकाराक शिफारस केली. ही शिफारस स्विकारून केंद्र सरकारान गोंय, दमण आनी दीव ओपिनीयन पोल बील १९६६ पास केलें. ताका राष्ट्रपतीन ११ डिसेंबर १९६६ मंजुरी दिले उप्रांत १६ जानेवारी १९६७ हो दीस ओपिनीयन पोलाखातीर निश्चीत जालो. गोंयाभायर राबितो करून आशिल्ल्या मूळ गोंयकारांक ओपिनीयन पोलांत मतदान करपाक मेळचें वा तांचे खातीर पोस्टल मतदानाची सोय आसची असो एक प्रस्ताव आसलो. पूण विधान सभा आनी लोकसभा हांचे वेंचणुकेखातीर तयार केल्ले मतदान वळेरेंतल्यांच मतदारांक मतदान करपाचो हक्क मेळलो. बाकिच्यांक मेळलोना.

१९ जानेवारी १९६७ दिसा पोलाचो निकाल जाहीर जालो तेन्नाची मतदानाची आंकडेवारी अशी आसा.

प्रदेश	गोंय	दमण	दीव
वट्ट मतदार	३८८३९२	--	९९१२
वट्ट मतदान	३१७६३३ (८१.७%)	९६७१	५९४८
स्वतंत्र राजकीय अस्तित्व (संघप्रदेश)	१७२१९१ (५४.२%)	८२५४	५४७८
शेजारच्या राज्यांत विलिनीकरण	१३८१७० (४३.२%)	११४९	२४६
बाद मता	७२७२ (२.३%)	२६८	२२४

ओपिनीयन पोल जिखून गोंयाक स्वतंत्र राजकीय अस्तीत्व प्राप्त जाल्ल्यान, फुडें गोंयांक घटक राज्याचो दर्जो मेळलो. वेगळे राज्य मेळिल्ल्यान गोंयकारांक आपली राजकीय, आर्थीक, शिक्षणीक, भाशीक, उद्योगीक उदरगत आपल्या मनासारकी करपाची संद प्राप्त जाली. शेजारच्या राज्यांत गोंयचें विलिनीकरण जाल्लें तर त्या राज्याचो एक ल्हानसो जिल्लो इतक्यापुरतें गोंयचें राजकीय अस्तीत्व उरपाचें आनी अशा ल्हान अस्तित्त्वाचे मर्यादेंत गोंयचे उदरगतीक वाव मेळचो नासलो. हे नदरेन ओपिनीयन पोलाक गोंयचे परकी सत्तेंतल्यान जाल्ले मुक्तताये इतलेंच म्हत्व प्राप्त जावंन ती गोंयाखातीर इतिहासीक घडणूक थारता.

भारताच्या राजकीय इतिहासांतय ह्या एकमेव अशा ओपिनीयन पोलाक खाशेलें म्हत्व आसा. अशे तरेचो घेतिल्लो हो पयलोच ओपिनीयन पोल आसा. भारतीय संघ राज्यांत महाराष्ट्र – कर्नाटक, केरळ–कर्नाटक अशे राज्यां राज्यांमदले शिमेप्रस्न आसात ते सोडोवपाच्या संदर्भांत थंय ओपिनीयन पोल घेवपाचे प्रस्तावय आयल्यात. पूण तसो पोल आजून मेरेन खंय घेवंक ना.

– सं. मं.

ओल्ड गोवा : ओल्ड गोवा वा व्हेल्य गोवा हो तिसवाडी तालुक्यांतलो एक गांव. अक्षांश १५ अंश ३०' ३०'' उत्तर आनी रेखांश ७३ अंश ५४' ३०'' उदेंत. हो गांव गोमती (मांडवी) न्हंयच्या कांठार वसला. ह्या गांवाक एका काळार 'उदेंतेचें रोम' अशें म्हणटाले. हांगा उदेंत आनी अस्तंत देशांच्या वेपाराचें दिवप – घेवप जातालें. ह्या गांवाची कला, संस्कृताय, देव–दैवतां, संवसारीक नामनेच्यो इगर्जी हांची सासाय खूब व्हड आसा.

ओल्ड गोवा ही पोर्तुगेजांचे मुस्तींत इ. स. १८४३ मेरेन गोंयची राजधानी आशिल्ली. उपरांत ही राजधानी पणजी ह्या शारांत व्हेली. तेन्नासावन पयलिंचे राजधानीक 'व्हेल्य गोअ' (Velha Goa = Old Goa) आनी नवें राजधानीक 'नोव्ह गोअ' (Nova Goa म्हळ्यार New Goa) अशें म्हणपाक लागले.

आयज ओल्ड गोवा हांगा म्हत्वाच्या इमारतिंचे पुर्विल्ले अवशेश आनी कांय इगर्जी सोडल्यार आनीक कांयच उरूंक ना. ह्या शराक तेन्ना भोंवतणी तटबंदी आशिल्ली. तातूंत भितर हेर इमारतिंवांगडा आयच्या

सेंट फ्रान्सिस झेव्हियर

बाँ जेझुस चर्च

सेंट कॅथरीन कपेलाचे अस्तंतेक Ribeira Grande (Great Embankment) म्हळ्यार तोफखानो आनी टंकशाळा आशिल्ली. तेचप्रमाण ते तटबंदींत सांत कातारिनचो धक्को, आर्चबिशपचो कैदखानो, आल्जूब, सेंट मार्टीनचें कपेल, सांत बोअ व्हेन्तूर कॉलेज आनी राजाचें ओशिपताल आशिल्लें. पोर्तुगालासावन येवपी वेपारी जहाजांखातीर Ribeira das Gales हो धको आशिल्लो. राजधानिच्या कामकाजाचें आनी वेपाराचें केंद्र Terreiro Grande आशिल्लें. व्हिसेरैची पलास आशिल्ली, ताका 'फोर्ट पॅलेस' अशें म्हणटाले कस्टम हाऊस, पलासिचो अस्तंतेक व्हिसेरैच्या आर्कांकडल्यान वचपी गोंयचो त्या काळांतलो नामनेचो रुआ दिरैत मार्ग (२ किमी.) आशिल्लो. भौशीक पावणेची सुवात ह्याच मार्गार आशिल्ली.

आयज जे सुवातेर 'ओल्ड गोवा' धको आसा, ताका तेंकुनूच पयलिंचें प्रवेशद्वार आशिल्लें. थंयच व्हिसेरैचें आर्क आसून तें काळ्या पाशाणान बांदलां. ताका Arco-dos-vice-reys अशें म्हणटात.

व्हाईसरॉय – कमान

व्हिसेरै आर्काच्या दावे वटेन आदिलशहाच्या किल्ल्याचें 'महाद्वार आसा. मुखेल दार काळ्या पाशाणाचें आसा. थंय वचपाक स सपणां आसात. किल्ल्याचें कोरीव काम पक्कें हिंदू शैलिचें जावन आसा. हें बांदकाम तेन्नाचो गोंयचो राजा साबाजी हाणें केल्लें. हो किल्लो आदिलशाही बादशहांनी गोंयचेर पोर्तुगेजांनी घुरी घालपाआदीं काबीज केल्लो. किल्ल्याची पालास वा Palacio de Fortaleza हे पोर्तुगेज व्हिसेरैचो राबितो आशिल्लो.

सी कॅथेड्रल ही ओल्ड – गोवाचे इगर्जिंभितरली प्रतिभाशाली इमारत उदेंतेक तोंड करून उबी आसा. ते इगर्जीक ३ कमानी दरवटे आसात. हे इगर्जिच्या भायल्या बांदकामाची शैली तुस्कान डोरीक प्रकारची आनी भितरल्या रेखीव बांदकामाची शैली मोझेक – कोरींथियन प्रकारची जावन आसा. उजवे वटेन चार कपेलां आसात. पयलें – सेंट अँथनीचें, दुसरें – सेंट बर्नाडचें, तिसरें मिरेकल्स क्रॉसचें आनी चवथें – होली स्पिरिटचें. दावे वटेन चार कपेलां आसात : पयलें नॉस्स सिंयॉर दे नेसेसिदादूश, दुसरें – सां सेबाश्तियांव, तिसरें – सांतु साक्रामेंत आनी चवथें – नॉस्स सिन्योर द बोअ व्हीद.

इंकिझिसांवाची (inquisition म्हणजे धर्मछळ) इतिहासीक सुवात कॅथेड्रल चौकाचे दक्षिणेक आशिल्ली. हें व्हडलें इमारतींत खूब सालां, घरां, कैदखाने, कपेल, सभाघर आनी त्रिबुनाल (न्यायालय) आशिल्लीं. सभाघराक 'मेझ दु सांतु ऑफिसियु' (Board of Holy Office) अशें म्हणटाले. इंकिझिसांव त्रिबुनाल (कोर्ट) 'पॅलेस ऑफ इंकिझिसांव'च्या सभाघरांत भरतालो. पूण ख्यास्त दिवपाचें काम से कॅथेड्रल वा बॉ जीझस इगर्जींत 'आउतु द फे' (Auto de Fe') जाल्याउपरांत जातालें.

इंकिझिसांवाच्या वाडट्या अत्याचारांक लागून पोर्तुगालचो प्रधानमंत्री मार्कूस दे पोंबाल हाणें १७७४ वर्सा गोंयचे इंकिझिसांवाची शाखा बंद केली.

सेंट फ्रांसिस ऑफ असीसीचें कॉन्व्हेंट से कातेद्रालाचे अस्तंतेक आसा. ते १५१७ वर्सा फ्रांसिस्कन अनुयायांनी बांदिल्लें. १७६२ वर्सा आनी १७६५ वर्सा तें परत बांदलें. कॉन्वहेंटाक तेकुनूच 'सेंट फ्रांसिस ऑफ असीसी' इगर्ज आसा. ही इगर्ज १५२१ त बांदिल्ली पूण १६६१ त परतून नवी बांदली. सेंट फ्रांसिस ऑफ असीसीच्या कॉन्व्हेंटांत आनी इगर्जींत सतराव्या शेंकड्यांतली धर्मीक कला पळोवंक मेळटा. इगर्ज बांदपाची शैली तुस्कान प्रकारची, पोर्तुगेज गोथिक वा मानुएलीन शिल्पकलेचे प्रकारची जावन आसा. भितर सेंट फ्रांसिस ऑफ असीसीचो लांकडी पुतळो आसा तेच प्रमाण लांकडाचेर कोरिवकाम केल्लीं सेंट फ्रांसिस ऑफ असीसीचीं चित्रां आसात.

कातेद्रालांचे दावे वटेन कांय अंतराचेर बाँ जेजू बॅझिलिकाची सां फ्रांसिश्कु शाव्हियर ह्या म्हान संताची इगर्ज आसा. हे इगर्जेंत ह्या म्हान संताची कूड फावशे वखदी संस्कार करून एके पेटयेंत सांबाळून दवरल्या. दर वर्सा ३ डिसेंबर ह्या दिसा हांगा ह्या संताच्या नांवान व्हड फेस्त (जात्रा) जाता. हे जात्रेक गोंय तशें गोंया भायले भावीक व्हड संखेन हजेरी लायता. हातूंत ख्रिश्चनावांगडा हेर धर्माचेय लोक आसता. तेभायर सांत कातारीन, सांतु आंतोनियु, अवर लेडी ऑफ रोझरीचें कपेल अशीं कितलिशींच कपेलां ओल्ड गोवा हांगा दिसतात.

ह्या गांवांत सेंट फ्रांसिस ऑफ असीसीचे इगर्जेसामकार Archaeological Survey of Indiaचें पुराणवस्तू संग्रहालय आसा. तातूंत गोंयच्या वेगवेगळ्या वाठारांनी मेळिल्ले पुर्विल्ले अवशेश आनी मुर्ती आसात.

गोंय राज्य आनी केंद्र सरकार (ICAR Reasearch Complex) हांची २ कृषी संशोधन केंद्रां ह्या गांवांत आसात. हांगाच्या बाजारांत पांच रस्ते एकठांय जातात थंय मर्दी महात्मा गांधीचो व्हडलो पुतळो आसून गांधीजी एके हरिजन चलयेच्या खांदार हात घालून उबो आसा अशें दाखयलां.

ओल्ड गोवासावन लागींच ब्रह्मपुरी हांगा गोमंतेश्वर वा गोवेश्वर हें शिवाचें देवूळ आसा. हें देवूळ सुमार पंदराव्या शेंकड्यांत बांदिल्लें, पूण ताचो जिर्णोद्धार शके १८६९ म्हळ्यार १९४७ वर्सा केलो. हांगा महाशिवरात्रेचो उत्सव मोट्या थाटांत मनयतात.

– सं. मं.

ऑमलेट : एकापरस चड जिन्नस एकठांय तळसून केल्लो पदार्थ. ऑमलेट शिवराक (शाकाहारी) आनी मांसाहारी करतात. शिवराक ऑमलेटींत तोमाटां हो मुखेल जिन्नस आसता आनी. तिका तोमाट ऑम्लेट म्हणटात. तांतयां घालून केल्ले मांसाहारी ऑमलेटीक तांतया ऑम्लेट म्हणटात.

तांदूळ, गंव आनी चण्यापिठाच्या, उदकान भिजयल्ल्या मिश्रणांत उबो चिरिल्लो कांदो, जिते मिरसांगिचे कुडके, ओली कोथमीर आनी नाल्लाची सोय आनी तोमाटांची मुड्डून केल्लो गर बुडोवन दवरता. रूची पुरतें मीठ घालून हें सगळें मिश्रण कालोवन घेता. उप्रांत ह्या दाट बडबडीत मिश्रणाचो थोडो वांटो दवल्यान घेवन तो शेगडेर तापिल्ले सपाट कायलीर जायतितल्या प्रमाणांत पातळटा. एक बाजू भाजून जाली म्हणटकीर कायलीर पातळून पोळो कशें

जाल्ल्या मिश्रणाची दुसरी बाजू भाजून घेता. मिश्रण कायलीक दसचें न्ही वा उज्या मारान मिश्रणाची कायली वयली बाजू करपुंची न्हय म्हणून कायलीर तेल वा तुपाचो लेप लायता. अशेतरेन तयार जाल्ली तोमाट – ऑमलेट अधीक रुचिखातीर सांबार, वा चटणे वांगडा खाता.

तांतयां – ऑमलेट करताना, एक वा दोन तांतयां घेवन तांचीं कल्ला फोडून तातुंतलो बोळ (धवो पदार्थ) आनी मुंडली (हळडुवो पदार्थ) एका आयदनांत घेवन दोनय पदार्थ एकजीव जायमेरेन चमच्यान खिरयतात. उप्रांत तातूंत उबो चिरिल्लो कांदो, जित्यो मिरसांगेचे कुडके, मीठ घालून, जाय तितकें प्रमाण दोवल्यांत घेवन तें तापिल्ल्या तव्यार पसरतात. तव्याक तांतयांचो भाग दसचो न्ही म्हणून ताचेर तेल वा तुपाचो लेप लायता. आरतून परतून दोनय बाजू फावशाप्रमाणांत भाजून घेवन तयार जाल्ली ऑमलेट तव्यावयल्यान काडटात.

तांतयां – ऑम्लेट, तोमाटां – ऑम्लेटिसारकीं एकोडी खायना. ती पावावांगडा खाता. म्हणून पाव –ऑम्लेट हें जोड नांव तिका मेळलां.

तोमाट – ऑम्लेट हो पदार्थ चडसो हॉटेलांनी मेळटा. पाव – ऑम्लेट मात हॉटेला वांगडाच, रस्त्याकुशीक आशिल्ल्या गाड्यांचेरय मेळटा. कांय गाडे फकत पाव – ऑम्लेटच तयार करता जाल्ल्यान तांकां पाव – ऑम्लेट गाडे म्हणून वळखतात. कांय गाड्याचेर रस्सा – ऑम्लेट करता. हातूंत सर्वसादारण ऑमलेटिवांगडा चिकनाचो रस्सोय दिता. पाव – ऑम्लेट हे सकाळच्या नाश्ट्याचें खाण म्हणून चड खावप जाता.

– सं. मं.

ऑल सोल्स डे : पळयात : आल्मां फेस्त

औंटकी : एक पाढो औंट म्हणजे साडेतीन ($३\frac{१}{२}$) आनी औंटकी म्हणजे साडेतिनाचो पाढो. आदल्या काळात प्राथमीक शिक्षणांत पाढे शिकयताले. हे पाढे गुणाकाराचेर आधारून आसताले. आनी ताक. धा खिस्ती आसताल्यो.

पयली खीस्त एकान (१) सुरू जावन उप्रांत दोन तीन, चार करीत धा मेरेन पाढो चलतालो. पयले खिस्तीन पाढ्याचो पयलो आंकडो तर दुसरे खिस्तीन पाढ्याचो पयलो आंकडो तर दुसरे खिस्तीन पयल्या आकड्याक दोन (२) आंकड्याच्या गुणाकारान आयिल्लो आंकडो, तिसरे खिस्तीन तीन (३) चवथेंत चार (४) अशें करीत निमणे खिस्तींत धा आकड्याच्या गुणाकारान आयिल्लो आंकडो दाखोवन पाढो सोंपतालो. देखीक औंटकी पाढ्याचो अशो खिस्ती आसताल्यो.

एक औंट औंट, ($३\frac{१}{२}$ x१ = $३\frac{१}{२}$),
बें औंट सात ($३\frac{१}{२}$ x २ = ७),
तीन औंट साडे धा ($३\frac{१}{२}$ x ३ = $१०\frac{१}{२}$),
चार औंट चौदा ($३\frac{१}{२}$ x ४ = १४),
पांच औंट साडे सतरा ($३\frac{१}{२}$ x ३ = $१७\frac{१}{२}$)
स औंट एकवीस ($३\frac{१}{२}$ x६ = २१),
सात औंट साडे चोवीस ($३\frac{१}{२}$ x७ = $२४\frac{१}{२}$),
आठ औंट अठ्ठावीस ($३\frac{१}{२}$ x८ = २८),
णव औंट साडे अकतीस ($३\frac{१}{२}$ x ९ = $३१\frac{१}{२}$),
आनी धा औंट पस्तीस ($३\frac{१}{२}$ x१० = ३५)

हो साडेतिनांचो धा आकड्यांमेरेनचो गुणाकार म्हणजे, आयतो तोंड पाठ जाल्लो हिशोब

आसतालो. साडेतीन रुपया, फूट वा तत्सम कसल्याच मोलावयल्यान / मापावयल्यानं खरेदी – विक्रेचो हिशोब करपाक पाटी काडी वा पेपर – पेन घेवन बसचें लागना आशिल्लें. तोंडातल्या तोंडात हो हिशोब करप जातालो. सद्याच कॅलक्युलेटर वा कम्प्युटराच्या वापरांत अशे हिशोब आयते उपलब्ध जाता आसले तरी आदल्या काळांतल्या वेव्हारांत अशा पाढ्यांचोच वापर सर्रासपणान जातालो.

पुरक नोंद : अडेजकी, देडकी, सवायकी, पाढे.

– सं. मं.

औदुंबर : पळयात : रुमड

औदी शेती : पळयात : शेती

कंटक, सांवळाराम घनश्याम : (जल्म : १५ मार्च १९०५, कुडचडे, मरण : १० एप्रील १९८४, कलकत्ता)

नामनेचो गोंयचो मराठी कथाकार आनी कल्पक संपादक. ताणें मराठी सवी, पोर्तुगीज प्रिमैरग्राव आनी इंग्लीश मॅट्रीक मेरेन शिक्षण घेतलें. पिरायेच्या २० व्या वर्सा 'ग्रॅहम्स' हें इंग्लीश कंपनीच्या मुरगांव फांट्यांत तो नोकरेक लागलो. स वर्सां उपरांत ताका शिपींग खात्यांत बढती मेळ्ळी. उरांत तो 'टायम्स ऑफ इंडिया' ह्या दिसाळ्याखातीर वास्को आनी मडगांव हांगा विक्रि एजंट आनी वार्ताहर म्हूण वावर करूंक लागलो. तेभायर ताणें मडगांवांत 'श्री मंगेश' एजन्सी नांवाचें पुस्तकां विकपाचें दुकान चलयलें. ताणें कांय वर्सां मराठी खबरांपत्रांचो वार्ताहर म्हूण वावर केला.

पिरायेच्या १८ व्या वर्सा ताणें बरोपाक सुरवात केली. १९२४ वर्सा 'भारत' ह्या सातोळ्यांत ताचो 'च्याचे वायट परिणाम' हो लेख उजवाडाक आयिल्लो. १९३० ते १९४५ ह्या पंदरा वर्सांच्या काळांत ताणें सुमार ४०० कथा बरयल्यो. ताचें पयलें ताणें लेख, कादंबरी, निबंध अशे साहित्यीक बरयले. ताचें पयलें पुस्तक 'आर्यश्री' (१९२८ – कादंबरी). ताचो 'सुमनगुच्छ' हो कथांझेलो १९३० त उजवाडाक आयलो. तेभायर 'स्वयंसेविका' (लघुकादंबरी), 'कणसाचे दाणे', 'शहाळी', 'जाईची फुलें' (कथांझेलो) तशेंच 'मीलन', 'डोळस आंधळा' ह्यो ताच्यो कादंबऱ्यो उजवाडाक आयल्यात. १९३० वर्सा ताणें 'सुबोध' नांवाचें एक म्हयन्याळें सुरू केल्लें.

१९३५ वर्सा मडगांव जाल्ल्या गोमंतक साहित्य संमेलनाच्या वेळार 'कोण काय करतील?' असो संमेलना पयलीं आनी संमेलना उपरांत 'संमेलन पुराण' अशें टिकात्मक लेख ताणें 'भविष्यवादी' ह्या टोपण नांवान बरयल्ले. गोंयचो सैम आनी प्रादेशिकता हांचें दर्शन ताच्या साहित्यावरवीं घडटा.

१९५४ वर्सा राजकी घडामोडींक लागून गोंयकारांच्या जिविताचेर परिणाम जाल्लो. गोंयाक भारतापसून वेगळें दवरपाचो वावर पुर्तुगीज सरकारान सुरू केल्लो. मुंबय–पुणे सांवन गोंयांत येवपी इंग्लीश, मराठी खबरांपत्रांचेर बंदी घाल्ली. तशेंच 'टायम्स ऑफ इंडिया' सोडून हेर सगळीं खबरांपत्रां बंद जाल्ली. 'टायम्स ऑफ इंडिया' खबरा पत्राचें

वितरण जावंचें पयलीं गोंयचेर कसलीय बातमी तातूंत छापून आयल्या काय ना, तें पळोवन गोंयचेर बातमी आयिल्ल्या अंकांचें वितरण जावंचें न्हय अशी बंदी एजंटांचेर घाल्ली.

कंटक हाणें हो हुकूम मोडलो, देखून सरकारान ताचेर खटलो भरून ताका दंड आनी बंदखणिची ख्यास्त फर्मायली. पूण ताका पोलिसांनी धरचे पयलींच तो मुंबय गेलो. उपरांत ताणें थंय टायम्साचो प्रतिनिधी म्हूण भारतभर भोंवडी केली. गोंयांतले मराठी साहित्यीक चळवळीक उत्तेजन दिवपांत ताचो वांटो आसा. १९५६ वर्सा मालाड हांगा भरिल्ल्या गोमंतक मराठी साहित्य संमेलनाचो तो स्वागताध्यक्ष आशिल्लो. १९५८ वर्सा तो 'स्टेट ट्रेडिंग कॉर्पोरेशन'' हातूंत कामाक लागलो आनी फुडें १९६२ वर्सा निवृत्त जालो.

– सं. म.

कंबळा (Buffalo racing) : कर्नाटकांत, विशेश करून दक्षीण कन्नड जिल्ह्यांतल्या, कृषी संस्कृतींतलो एक मनोरंजनाचो लोक खेळ. शेतांतल्यो दोन पिकांमदल्या रित्या काळांत हो खेळ शेतांतच खेळटात. दोन रेडे एका वांगडा धांवडावपाचो हो खेळ लोकांमदीं खूप प्रिय आसा. ह्या खेळांत धांवपी रेड्यांक, हें धांवपाचें काम सोडून दुसरें कसले काम दिनात. तशेंच कंबळ खेळांत सर्त, पैज वा इनाम आसना. फकत रेड्यांची धांवपाची ताकद आनी कला तोखेवप जाता.

कंबळा खेळाखातीर दोन रेड्यांक तांचे ल्हान पिरायेचेर वेंचून काडटात आनी तांका वांरिल्ले उडीद, खोबऱ्या – पेंड, शेंगांपेंड अशी ताकद दिवपी खावड खावयता. तांचें आंग तिळेल लावन, हून उदकांत न्हाणयता. ल्हानपणा सांवन ताची भलायकी सांबाळपाक आनी ताका धावपाचे कलेंत तयार करपाक एका मनशाची नेमणूक करता. अशे रेडे हे बंट, जैन आनी हेर गिरेस्त, जमिनदार लोक मुद्दाम कंबळाखातीरच पोसता.



कंबळा खेळा – दिसा, रेड्यांचो धनी आनी रेड्यांचो सांबाळ करपी सेवक रेड्यांक मिरवणुकेंतल्यान कंबळा – खेळाच्या शेतार घेवन येता. रेड्यांचे फाटीर, मखमली लुगटांचेर, सूर्यदेव, चंद्रदेव, शिवलींग हांचीं चित्रां, रेड्यांच्या धनयाचें नांव आनी ताच्या गांवाचें नांव चितारता. तांच्या गळ्यांत फुलां–माळ, घाटीं–माळ घालता. मिरवणुकेंत फुडल्यान, तुतारी, शंख, फोग मारून वाजत–गाजयत मिरवणुकेंतल्यान रेडे शेतार येता. ह्या रेड्यांक कळ्ळे आनी बोळ्ळे अशा थळाव्या नांवांनी पाचारता.

कंबळा खेळाखातीर ४५० फूट लांबयेची शेताची सुवात वेंचतात. हे सुवातींत १ फूट उदक उरता. जायते फावट ह्या खेळाखातीर समांतर अशीं दोन

शेतां वेंचतात, तांका जोडूकेरे म्हणटात. धांवपाचे थारायल्ले शिमेक मंजोट्टी म्हणटात. हग्गद ओट (rope race), केनहलगे ओट (Wooden Ply race) आनी हलगे ओट (levellar Plank race) अशे तीन कंबळा - खेळाचे प्रकार आसात. कांय खेळांनी शंभरा वयर रेड्यां - जोडयो वांटो घेता. ऑक्टोंबर ते फेब्रुवारी मेरेन हो खेळ खेळटात.

पुरक नोंद : धिरयो.

- डॉ. गीता शेणै

ककीफळ : पळयात : कणेर

कट्टी फुगडी : पळयशात : फुगडी

कठपुतळी खेळ : पळयात : खामसुत्री बावल्यां खेळ

कडकडी : बायलांची केंसांत वापरपाची एक भांगराची वस्त (दागिनो). हिका ''कडकडी आटी'' अशेंय म्हणटा. माथ्यावयल्या केंसांनी खोवपाक दोन - तीक आंकडे आशिल्ली अर्द गोलाकार, आटी आनी तिचेर स्प्रींगीचेर बसयल्लीं भांगराची फुलां आसता. हीं फुलां स्प्रींगीचेर बसयल्लीं भांगराची फुलां आसता. हीं फुलां स्प्रींगीचेर बसयल्ल्यान, आंटी माळपी बायल चलता भोवताना वा हेर कसलीय हालचाल करताना स्प्रींगीवयलीं फुलां कडकडल्यावरीं हालता. म्हणून हिका ''कडकडी फुलां'', वा ''कडकडी फुलां आटी'' म्हणटा. हिचेवयलीं फुलां सतत हालत रावता म्हणून हिका ''हालती फुलां'' अशेंय म्हणटा. आदल्या तेंपार सर्रासपणान माळप जातालें ती ही वस्त आतां उण्या प्रमाणांत माळिल्ली दिसता.

- सं. मं.

कडकडे, अजीत : (जल्म : ११ जानेवारी १९५२, दिवचल)

एक नामनेचो गोंयकार गायक. पं. जितेंद्र अभिषेकी हांचो पट्टशिश्य. बापायचें नांव सदानंद आनी आवयचें नांव प्रेमा. अजीत हांकां ल्हानपणासावन गायन आनी वादनाची आवड आशिल्ली. गोंयचो नामनेचो संगितकार सर्गेस्त सखारामबापू बरवे हांचेकडेन ताणें पिरायेच्या इकराव्या वर्सासावन हार्मोनियम वादनाचें शिकप चालू केलें. सूर-तालाची उपजण देण आशिल्ल्यान ताणी हार्मोनियम वादनांतल्यान शास्त्रीय संगिताचें गिन्यान आपणावपाक सुरवात केली. उपरांत ताणें दिवचले श्रीपादबुवा माडये ह्या जाणकाराकडेन गायनाचें शिकप चालू केलें.

गोंयचो नामनेचो गायक आनी संगितकार पद्मश्री पं. जितेंद्र अभिषेकी हांचेकडेन गायन शिकपाची ताची उपाट इत्सा आशिल्ली. एक दीस पं. अभिषेकी हांचो कार्यक्रम दिवचले जालो तेन्ना अजिताची ही इत्सा पुराय जाली. अभिषेकी हाणें ताका मुंबय आपणासरी शिकपाखातीर आपयलो. पं. अभिषेकी हांचेकडेन अजिताचें पद्धतशीर शिकप सुरू जालें. खर मेहनत

आनी शिकपाची आवड ह्या गुणांक लागून ताच्या संगीत कलेच्या अभ्यासाक एक नवें मोडण मेळ्ळें. कांय वर्सांभितर ताणें स्वतंत्रपणान गायनाचे कार्याक्रम करपाक सुरवात केली. फुडें सर्गेस्त गोविंद प्रसाद जयपुरवाले हाचेकडेन पं. अभिषेकी हाचें सुचवणेवेल्यान ताणें शिकप चालू दवरलें.

पं. अभिषेकी हाच्या मार्गदर्शनाक लागून 'संत गोरा कुंभार' ह्या नाटकांत पयलेच खेप काम करून तो मराठी रंगमाचयेर पावलो आनी गायक नट म्हूण ताणें नांव मेळयलें. उपरांत ताणें 'सौभद्र,' 'संशयकल्लोळ', 'कुलवधू', 'महानंदा', 'कधीतरी कोठेतरी,' 'अमृत मोहिनी' ह्या संगीत नाटकांनी आपलें कसब दाखवोन नामनां जोडलीं. पूण नाटकांतल्यान गायक नट म्हूण नामनां मेळोवचेपरस शास्त्रीय गायनाचे कार्यक्रम करपाचेर ताणें चड लक्ष दिलें. दिल्ली, कलकत्ता, मद्रास, हैदराबाद, भिलाई, इटारसी, नागपूर, गोंय पुणे, विलासपूर, महाराश्ट्रांतलीं हेर म्हत्वाचीं शारां, बेळगांव, रायपूर आनी देशांतल्या हेर कितल्याशाच भागांनी ताच्यो मैफिली गाजल्यात.

भजन-अभंग, भक्तिगीत, नाट्यगीत आनी कोंकणी गीतां समर्थपणान गावपाखातीर ताणे नामनां जोडल्या. आकाशवाणी आनी मुंबय दूरदर्शनावयलो तो लोकप्रिय कलाकार आसा. भावगीत, भक्तिगीत आनी नाट्यगीत अशो ताच्यो वट्ट ४५ स्वतंत्र ध्वनी कॅसेटी आयल्या. 'मारता उलो दामोदराक' ही जांबावली (गोंय) च्या दामोदर देवाचे भक्तीगितांची कोंकणी कॅसेट गोंयभर बरीच गाजली. ताच्या गायनांत नव्या-नव्या प्रयोगांचो वापर जाल्लो दिसून येता. 'झणी दे करया,' भक्तिवाचूनी मुक्तीची', 'सजल नयन,' 'कर हा करी,' 'विठ्ठला मीच खरा अपराधी' हींय पदां ताचें खूब गाजल्यात. आकाशवाणीचेर ताणें कांय कोंकणी गीतांय गायल्यात.

– सं. मं.

कडबु : पळयात : पातोळी

कडवो : चुडटां, मल्लां वा तणांपासून केल्ली आडवण (Partition) बांदकामांत ही आडवण पाऱ्याचें (वण्टीचें) काम करता. चडशा खोपींक वण्टी नासता. थंय वेगळे खण (कुडी) करपाक कोंड्याच्या कांबिची चौकट उभी करता आनी ती चुडटां, मल्लां, वा तणान भरून काडटा. कांबिचे चौकटींत ह्यो वस्तू भरून, दोरयेन वा सुमान आवळून बांदता. चडशा खोपिंचे भायले तशे भितरले पारे (वण्टी) ह्यो कडव्यांच्योच आसता, तर कांय खोपिंचे भायले पारे मातयेचे आनी भितरल्या पाऱ्यांजाग्यार कडवे उबे करतात.

– सं. मं.

कडसरी : न्हंय वा पोंयतलें नुस्तें धरपाचो लाकडी पांजरो. कोंड्याच्यो बारीक बड्यो घेवन त्यो सुमान (काथ्याची दोरी) बांदून, त्या बडयांचो एक लांबसो पांजरो करता. ताच्या तोंडाची अशी रचणूक करता की तातुंतल्यान नुस्त्याक अचळय भितर सरपाक जाता, पूण भायर सरपाक सहजतायेन जमना. भितर सरपाची वाट सरळ आसता, पूण भायर सरताना वळण घेवचें पडिल्ल्यान, नुस्त्याचे पाखाटे तशें आंग थंय अडकता. ही कडसरी उदकांत खरीक दवरता आनी ती व्हांवन वचची न्ही म्हणून तिचेर चड अशे फातर दवरता. कडसरिचो वापर चडसो व्हांवत्या उदकांत जाता, कारण व्हांवत्या उदकाच्या झोतार नुस्तें कडसरींत देंवपाक सोपें जाता. कडसरिचें दुसरें तोंक आवळून बांदता आनी कडसरिंतल्यान नुस्तें भायर काडपा वेळार हें तोंक सदळ करून काडटा. चड करून चडणेचें नुस्तें कडसरेंत फारावता.

– सं. मं.

कडी : एक पातळ खाणा–पदार्थ. 'कडी' हें उतर दोन तरेच्या पदार्थांक वापरता. एक कडी म्हणजे नुस्त्याची कडी. भोवजनसमाजांत हें उतर मुखेलपणान घोळटा. पूण नुस्त्याचे कडयेक 'हुमण' हें उतर बामण समाजांत सर्रासपणान चलता. हालिंसरां नुस्त्याचे कडयेक 'हुमण' म्हणपाची चाल गोंयांत सगळ्या समाजांमदीं पातळ्ूंक लागल्या. गोंयचें अशें खाशेलें जेवण 'शीत–कडी' म्हणटा तेन्ना तें शीत आनी नुस्त्या कडी आसता. कारवारा वाठारांत कडयेक आंबट म्हणटात.

दुसरी कडी म्हणजे शिवराक कडी. हिका 'सोलकडी' अशेंय म्हणटात. जे लोक नुस्त्याचे कडयेक 'कडी' म्हणटा ते हे शिवराक कडयेक सोल कडी म्हणटात. हातूंत भिण्णां सोलांचो मुखेल आस्पाव आशिल्ल्यान तिका 'सोलकडी' हें नांव पडलां. हे सोलकडयेंत सोलां वांगडां, मिरसांगो, वोंवों, लसूण, हींग, ओली कोथमीर अशे जिरवणेक बरे पडपी जिन्नस घालतात. ही कडी जेवणाचे अखेरेक थोडया, शितांत कालोवन वा निखटी पियोवन खाता. तशें केल्ल्यान जेविल्लें जड (बादड) जेवण पचपाक सोंपें जाता असो अणभव आसा. हे शिवराक कडयेचें तीन प्रकार आसात.

१) सोलकडी

साहित्य : अर्द वळ्याची सोय, ४ मिरयां, भिण्णांची ८ सोलां, ४ हरव्यो वा सुक्यो मिरसांगो, अर्द चमचो वोंवो, लसणिच्यो पांच पाकळ्यो (परबां दिसांनी गोंयात लसूण घालीनात), रुचीपुरतें मीठ.

कृती – सोलां आनी मीठ इल्ल्याशा उदकांत भिजोवंचे. सोय मिरसांगो, मिरयो, वोंवो आनी लसूण एकठांय वांटून तांचो दाट रोस ह्या सोलां–मिठाच्या उदकांत पिळचो. बरे चाळून घेवचे. जाय जाल्यार हे कडयेक हींग आनी सांसवांची (तेलांत) फोण्णां घालू येता.

२) फुटी कडी

एक पेलो उदक घेवचे. तातूंत चार भिण्णांची सोलां घालची, अर्द हरवी मिरसांग कापून घालची तशेंच अर्द चमचो हिंगाचो पिठो, एक व्हडलो चमचोभर बारीक शिनिल्ली कोंथबीर भाजी घालची. सगळे बरे चाळचे. रूची पुरतें मीठ तातूंत घालचे. जांका साखर चलता ताणें तातूंत अर्द चमचो साखर घालची.

३) ताकाची कडी

एक पेलोभर सोयेचो दाट रोस घेवचो. तशेच एक

पेलोभर ताज्जे अशे ताक घेवचे. एका तोपांत एक चमचो खोबरेल तेल घालून मंद उज्यार दवरचे. मागीर तातूंत अर्द चमचो सांसवां घालची. करबीलाची ५ पानां घालची. एक बारीक शिनील्ली हरवी मिरसांग घालची, अर्द चमचो हींग घालचो, सांसवां पुटपुटली की तातूंत ताक ओतचें. नाल्लाचो रोस ओतचो. रूचीपुरते मीठ घालचें. चिमटीभर हळडिचो पिटो घालचो. मात्शें शिजोवचें आनी उजो बंद करचो. चड शिजयल्यार ही कडी फुट्टा.

कडी हो जेवणा–पदार्थ मुखेलपणान कोंकण प्रदेशांतलो आसलो आनी उप्रांत तो वेगवेगळ्या रुपांत भारतभर गेलो आसलो, तरी सद्याक हो पदार्थ वैश्वीक जाल्लो दिसता. तशेंच सुर्वेक मुखेलपणान नुस्त्या कडी आनी सोलकडी अशा दोनूच प्रकारांत आशिल्ले हे कडयेचे संसारभर कितलेशेच प्रकार जाल्यात. भारतीय नुस्त्या–कडयेच्या रांदपाची पद्दत आनी तातूंतं वापरता त्या मसाल्याचो वापर करून नुस्त्या कडये वांगडाच हेर जिन्नस (शिवराक तशे मांसाहारी) घालून वेगवेगळ्या देशांनी, विशेश करून थंयच्या हॉटेलांनी (चडशां भारतीयांनी चलयल्ल्या हॉटेलांनीं) कडी हो खाणा–प्रकार लोकप्रिय जाला. देखीक नुस्त्या कडी, तिसऱ्यां कडी, अळम्यां – कडी आनी त्या त्या देशांनी मेळपी जिन्नसांची – कडी करप जाता. जपान, इंग्लंड, जर्मनी, फ्रान्स, दक्षीण आफ्रिका, मलेशिया, इंडोनेशिया अशा साबार देशांनी कडी हो एक मुखेल खाणा–पदार्थ जाला.

जपानांतल्या योकोहामा शारांत आनी जर्मनिंतल्या बर्लीन शारांत कडयेचे वस्तुसंग्रहालय (museums) उबारल्यात. फकत कडी ह्या एकाच विशयाक ओंपिल्लें नियतकालीक (magazine) "the curry magazine" इंग्लंडांतलो कडी – क्लब प्रकाशीत करता. इंग्लडांत दर वर्सा ''ब्रिटनाचो कडी महोत्सव'' १० दीस चलता. अमेरिकेसांवन प्रसिद्ध जावपी न्युयॉर्क टायम्सान घेतिल्ले सर्तींत संसारभर आंतरराश्ट्रीय अन्न म्हणून कडयेक नामना मेळल्या. पिझ्झा फाटोफाट कडी हो प्रकार संसारभर लोक खातात तसो दुसरो खंयचो खायना अशें सिद्ध जालां. मूळ कोंकणांतली ही कडी आंतरराश्ट्रीय पांवड्यार पाविल्ल्यान आनी तिणें थंय लोकांमदीं आपली खाशेली सुवात निर्माण केल्ल्यान, जपानांतल्या एका उद्योजकान, तिचें आपणाक पेटंट मेळचें म्हणून प्रयत्न करूनय पळयल्लो.

– सं. मं.

कडें : पळयात : कुडें (कुडी)

कण्ण : एक गोडशें. हें करपाची रीत अशी : लागपी जिन्नस : १ वाटी मुगादाळ, १२५ ग्रॅम गॉड, चार वाट्यो उदक, १ वाटी नाल्लां सोय, रूची पुरतें मीठ.

कण्ण करपाची पद्धत : मूग भाजून मिक्सरांत जावं जात्यार भरडून, दाळिची सालां फाफडून घेयात. मुगाची ही दाळ, ३ वाट्यो उदकांत शिजयात, दाळ मोव जातकच गॉड घालात. आनी ५ मिनटां शिजयात. सोय वाटात आनी १ वाटी उदकासयत कण्णां घालात. ५ मिनटां शिजयात मीठ घालून उजो पालयात. तातूंत घडये बियांचे कुडकेय घालूं येतात. भाजिल्ल्यो बियों चड रूच हाडटा.

कण्ण हें गोडशें. गोंयात चड करून उपासाक करतात. तातुंतल्यान प्रोटीन्स मेळटात. पोटाकय

थाकाय मेळटा. खूब रूचीकय लागता. भाजिल्ल्या मुगाच्या दाळिचो घमघम आगळोच येता. भुरग्यांक भुरगेंपणांत, जायत्यो आवयो भुरग्यांक हें कण्ण भरयतात. तें खूब पुश्टीक, आनी घटसाण दिवपी, करपाकय सोंपें अशें हें गोडशें चडशें गोंयकार करतात. देवकार्याक, लग्नकार्याकय हो जिन्नस करतात. आदल्या काळांत गांवांतल्या च्या हॉटेलांनीं हेर पदार्थावांगडा कण्णय मेळटालें.

– श्रीमती सुधा सुरेश आमोणकार

आषाढी आनी कार्तिकी एकादशिच्या उपासाक ना चुकता कण्ण करपाची चाल कोंकणांत आसा. ह्या उपासांतलें म्हत्त्वाचें खाण म्हणजे कण्ण. कोंकणांत नवें व्हकलेक आशाढ पावळे खातीर, आशाढ लागचे पयलीं कुळारा व्हरता. उप्रांत आशाढ एकादशीक तिचो घोव वा घोवाघरचीं तिका घोवाघरा व्हरपाक येता, तेन्ना कण्ण करपाक लागपी सामान आनी फळां घेवन येता.

– संदेश श्रीकांत बांदेकार

कण्णो (इरलें) : पावसापासून रक्षण करपी कुळवाड्यांचें साधन. पावसापासून रक्षण करपाक जशें दादले कांबळिची खोळ वापरतात तशो बायलो कण्णो वापरतात. कांबळिचे खोळिच्याच आकाराचो हो कण्णो आसल्यान, खोळी प्रमाणच कण्णो वापरतल्याचे हात काम करपाक मेकळे उरतात. खोळिचो सरयेचो हूक काडून कांबळ जमनीर पसरूं येता तसो कण्णो मात पसरूंक मेळना. ताची बांदावळ पक्की आसता. ताका इरलें अशेंय म्हणटा.

वयल्यान अर्दवर्तुळाकार तोपऱ्यासारको आनी सकयल्यान सपाट अशा आकाराचो हो कण्णो फुडल्यान उक्तो आनी फाटल्यान बंद आसता. कोंड्याच्या पातळ कांबिच्या सांगाड्यार चुडटाच्या मल्लाची शीर घेवन तिका दोरयांच्या आदारान तोपऱ्याचे आकार दिता. कण्णो माथ्यार घेवन पावसांत काम करताना तोपऱ्याच्या माथ्यार पडिल्लें उदक निस्तरून फाटिवयल्यान सकयल देंवता. कण्ण्याची लांबाय माथ्यापासून धोंपरामेरेन पावपाइतकी आसता. सत्र्यो, रेनकोट वा मेणकापडां (प्लास्टीक) योवचे आदीं, घरच्या घरा तयार जावपी आनी उण्या खर्चान घडपी

अशा कण्ण्यांचो सर्रास वापर जातालो. सद्याक अशे कण्णे व्हडलेंशें दिसना. तांचे सुवातेर आतां प्लास्टिकाच्यो खोळी वापरतात.

पुरक नोंदी : खोळ (कांबळ) सत्री, सातली

– सं. मं.

कणंग : (मराठी – रताळे, हिंदी – शकरकंद, कन्नड – गेणसु, इंग्लीश – इपोमिया पोटॅटो/स्वीट पोटॅटो, लॅटीन – डायोस्कोरिया एक्स्युलेंटा.)

कणंग हें एक खावपाचें मूळ. उश्ण वा समशितोश्ण वाठारांत कणंगांची लागवड जाता. कणंगांची वाल लांब कांडाची आनी पातळत वचपी (trailing) आसता. पानां मोठीं, हाता आकाराचीं आसतात. फुलां फुनेलाभशेन, तांबडीं, केसरी वा गुलाबी



रंगाची आसतात. कणंगांच्या वेलीक फुलां आनी बियो केन्नाय येतात. कणंगांचो आकार लांबट, तांतयांभशेन आसात. कणंगांचो रंग धवो वा तांबडो, भितल्ल्यान नारिंगी, भायल्यान लेव हळडुवो आनी पुडी कोराचो वा गुलाबी आसता. बियांपसून पीक येता, तें मूळ वनस्पतिवरीं जायना आनी ताकालागून नव्या कणंगांचें उत्पादन कणंगांक येवपी कोंबांपसून वा वेल कापून येवपी कोंबांपसून करतात. कणंगांची झाड – कणंगां म्हूण एक जात आसा. हाका ल्हानशें झाड जाता. म्हणून ताका झाड–कणंग अशें म्हणटात. ह्या कणंगांची खांदी रोयल्यार थंयच ताका कोंब आनी पाळां फुट्टात. हीं कणंगां आकारान बरींच बारीक आसतात. आंगार कोंगरे आशिल्लीं आनी चरबरीत कांटे आशिल्लीं 'कांटेकणंगां' नांवाची कणंगांची एक जात कोंकणांत आसा.

कणंगांच्या मुळांपसून काडिल्ले कोंब एक ते देड फूट अंतराचेर, एक फूट उंचायेचें आळें काडून पिकाळ, उश्ण जमनींत रोयतात. मुळाक कणंगां लागतकच इबाड जावचो न्हय म्हूण तीं रोखडींच काडटात. कणंगांच्या पिकाक चड फॉस्फोरस – पोटॅश आनी उणें नायट्रोजन ह्या प्रमाणांत रसायनीक सारें घाल्यार ताची वाड बरी जाता. शेण–सारें, पाचवे (पानां) सारें घालतकच 'स्कर्फ' ह्या कवक (Fungal) रोगांपसून ताची राखण जाता.

कोंकणांत लोक कणंगां उकडून खातात. चड करून उपासावेळार कणंगांची भाजी, आनी खीर करतात. तेभायर कणंगाचीं कापां तळटात, म्हानां करतात. आनी शेवयांचें घोंस करतात. रोसांत (पातळ भाज्जेंत) कणंगांची फोडी घालता. चवथिकडेन माटोळेक काटेकणंगां बांदतात.

– सं. मं.

कणसां फेस्त : भाताच्या वर्सावळी पिकाची लुवणी करचे पयलीं, देवाक, गुरूक आनी शासकाक भाताचीं नवीं कणसां अर्पण करपाचो धार्मीक विधी. किरिस्तांव समाजाच्या इगर्जिंनी जावपी ह्या विधीक

कणसां कापपाचो धार्मिक विधी

कणसां फेस्त वा नव्या फेस्त म्हणटात. गोंयांत जायत्या गांवांनीं हें फेस्त आगस्ट – सप्टेंबर म्हयन्यांत, जेन्ना शेत पिकता तेन्ना जाता. गांवच्या कमुनिदादच्या गांवकाऱ्यांच्या हातान ही पयल्या कणसाची कापणी जाता. ती करताना इगर्जेचो पाद्री शेताच्या कुणग्यांत येवन कापणी करताना प्रार्थना करता. उप्रांत त्या कणसांक इगर्जेंत व्हरून अशिर्वाद दिले उप्रांत लोक कणसां घेवंन आपल्या घरांत दवरता. अशी आशिर्वादाचीं नवीं कणसां घरांत आसप हें सूख आनी समृद्धिचें प्रतीक समजप जाता.

नवें फळ वा नवी निर्मिती ती प्राप्त करून दिवपाक मजत करपी देवाक अर्पण करपाचे प्रथेंतल्यान कणसां फेस्ता वा नव्यां फेस्त करप जालां. जें देवान मनशांखातीर दिलां, वा जाचे कृपेन तें मनशाक मेळलां त्या देवाचे उपकाराचे भावनेन तातुंतलें थोडें पूण पयलें देवाक दिवप हो ताचे फाटलो उद्देश आसा. देवा फाटोफाट धर्मगुरू वा राजा, तशेंच मानादीक व्यक्ती हांचोय हे निर्मितीक, आदार जाता हे भावनेन देवा वांगडा ह्या मानेस्तांकय नवीं कणसां अर्पण करप जाता.

ह्या फेस्ता वेळार नव्या कणसांपासून तयार केल्ले पदार्थ गरिबांक दिवपाची रीत आसा ती देवान दिल्लें सगळ्यांनीं वांटून खावंचे हें भावनेंतल्यान आयल्या. जमीन मालकाक जमीन कसतल्यांकडसून जो खंड (पिकाचो वांटो) दिवपाची पद्दत वा तसो आधुनीक अर्थशास्त्रांतलो नेम जाला ताचें मुळूय हे उपकार (thanks giving) मानपाचे परंपरेंत मेळटा.

भारत हो शेतीप्रधान देश जाल्ल्यान पिकावळिचो पयलो मान ती पिकावळ दिवपाक मजत करपी वेगवेगळ्या घटकांक दिवपाची रीत सगळ्या धर्माच्या लोकांमदीं आसा. कोंकणांत हिंदू लोक चवथीक नवें (नवीं कणसां) म्हणजे 'तोय' हाडून तीं गणपतिचे माटोळेक तशीं दारांतले तुळशिमुखार दवरून उप्रांत घरांत बाळगिता. आदल्या तेंपार चडशेकडेन आनी आतां कांयकडेन हिंदू लोक नव्या पंचम (श्रावण वद्य पंचम) मनयतात. गांवचो म्हालगडो गांवकार

शेतांत वचून, शेतांतल्या देवाक विडो-फुलां ओंपून, भाताचीं कणसां कापून तातुंतलीं कांय कणसां देवाक ओंपता. उप्रांत गांवचे लोक उरिल्लीं कणसां घरा व्हरून ताची पुजा करून, आंब्या पानांवांगडा ताचे तोर्ण करून, घराच्या दरवट्या मुखार लायता. भात हें समृद्धिचें प्रतीक मानून ताचेंवरवीं घरांत सूख-समृद्धी घडची असो विश्वास दवरता. 'गोरवां-पाडवो' आनी 'धेंडलो' हे दोन लोकउत्सव म्हणजे शेतकामाक मजत करपी गोरवांचे उपकार मानपाचो उत्सव. हांगा वर्सभर शेतांत काम करपी गोरवांक न्हावन - धुवून काडटात आनी तांकां गोंड्यांनी सजयता. तशेंच तांकां घटसाणिचे तांदळा-पोळे खावयता. तमिळनाडूंत पोंग्गळ परबेक धान्य निर्माण करपाक मजत करपी सूर्य देवाची प्रार्थना करून ताका पयल्या धान्याच्या (तांदळांचो) पायसाचो निवेद दाखयता, तशेंच गोरवांकय खावयता.



चवथीची नव्याची माटोळी

नवें धान्य पयली देवाक तशें हेर मानेस्तांक अर्पण करपाची प्रथा ही उपकाराचे भावनेंतल्यान आयली आसली आनी सुर्वेक ती शेत कसतल्याचे वैयक्तीक पांवड्यार उरली तरी काळांतरान, हेर प्रथांसारकें हिकाय सार्वजनीक स्वरूप प्राप्त जालें. सद्याक नव्या कणसांची देवाक ओंपपाची प्रथा अशीच वैयक्तीक पांवड्यावयल्यान, गांवीं पांवड्याचेर आनी पर्यायान गांवचे इगर्जे पांवड्याचेर पावली. गोंयच्या भोवतेक इगर्जिंनी कणसां फेस्ताचो विधी ल्हान-व्हड प्रमाणांत जाता. तातुंतल्या तिसवाडिंतल्या ताळगांव आनी साश्टिंतल्या राय गांवच्या कणसां फेस्ताक धार्मीक, सांस्कृतीक संदर्भावांगडा राजकीय संदर्भय लागिल्लो दिसता.

ताळगांव कमुनिदादचे गांवकार 'नवें' म्हणजे भाताचीं पयलीं कणसां वाजत-गाजयत मिरवणुकेन गोंयची आदली राजधानी आशिल्ल्या पोरण्यां गोंयांतले 'सीकॅथेड्रल' इगर्जेंत व्हरता आनी थंय पाद्रिकडसून तांचेर आशिर्वाद घेतात. थंयच्यान परत मिरवणुकेन पणजे आर्च बिशपाचे पॅलेसिचेर वचून ताका कणसां अर्पण करता. उप्रांत कणसां आनी नव्या भातांपासून तयार केल्ले फोव घेवन दोना पावल काबू निवासांत (गव्हर्नर पॅलेस) वचून गव्हर्नराक नवीं कणसां आनी फोव भेटयता. अशेच तरेन राय गांवचे गांवकारय कणसां गव्हर्नराक भेटयता.

हे प्रथेक कांय जाण पुर्तुगीज सराकारकडेन संबंध लावपी अख्यायिका सांगता. १५१०त आफोंस दू आल्बुकेर्क ह्या पुर्तुगीज अधिकाऱ्यान गोंयचो तिसवाडी तालुको जिखलो, तेवेळार ताच्या तारवांवयल्या भुकेल्ल्या खलाशांक ताळगांवकारांनी शीत वाडलें. ते बदला आफोंस द आल्बुकेर्क हाणें ताळगांवकारांक कांय सवलती दिल्यो. तेन्ना ताळगांवकारांनी तेन्नाचो गोंयचो गव्हर्नर आशिल्ल्या आफोंस द आल्बुकेर्क

हाका कणसां भेटयल्लीं. त्या खिणाची परंपरा म्हणून गव्हर्नराक कणसां भेटोवपाची प्रथा सुरू जाली. अशें सांगप जाता. अशीच आख्यायिका रायच्या आनी हेर कडच्या कणसांच्या संबंधी समाजांत घोळटा. पूण ह्या आख्यायिकां फाटल्यान तर्क संगत असो इतिहासीक पुरावो उपलब्ध जायना. देवाक, राजाक आनी हेर संबंधीत मानेस्तांक पयलें धान्य दिवपाची परंपरा सगळेकडेन खूप आदीं सांवन चलत आयल्या आनी हीच परंपरा कणसाचें फेस्त आनी गव्हर्नराक कणसां भेटोवप हाचे फाटल्यान आसूं येता.

पुरक नोंद : गोरवां पाडवो

– सं. मं.

कणेर : (मराठी – कण्हेर, हिंदी – कनेर, संस्कृत – अश्वमारक, गुजराती – कण्हेर, कन्नड – कणगालू, लॅटीन – नेरियम इंडिकम, मिल, इंग्लीश – इंडियन ओलिअँडर.)

वखदी वनस्पत. ही वनस्पत सादारण तीन मिटर उंचायेची आसता. धव्या–तांबड्या रंगाची घोंसांनी वासाळ फुलां फुलतात. कणेराचे एकेच खांद्येक दोन–तीन लांब तोंकांचीं धव्या पाचव्या रंगाची पानां आसतात. ताका चेपट्यो लांबट सांगो लागतात. ह्यो सांगो सादारण १५–२३ सेंमी लांबायेच्यो आसता. प्रत्येक सांगांच्या तोंकार तपकिरी रंगाचो केंसाचो घोंस भायर सरिल्लो दिश्टी पडटा.

कणेरिच्या फुलांच्या रंगावयल्यान धवीं, तांबडी आनी हळडुवीं कणेर अशें प्रकार पळोवपाक मेळटात. ही वनस्पत विखारी आसता.

कणेरिचें मूळ कोडू आसता. कणेरिचे मुळांनी सालिंनी आनी बियांनी कोडू ग्लुकोसाइड आनी फेनॉली सारकीं संयुगां आसतात, तीं काळजाचे पिडेचेर गुणकारी आसता. कणेर कमी प्रमाणांत घेत जाल्यार काळजाची क्रिया सुदारून काळजाक बळ दिता. पूण ती चड प्रमाणांत घेतल्यार ताचो वायट परिणामय जावं येता. कणेरिंच्या मुळांचो चूर्ण पोटांत घेतल्यार भूक वाडटा. तशेंच दंत (जंत) जाल्यार लेगीत हो पिठो उपेगाक पडटा. कांय कातिंच्या दुयेंसांवेळार कातीक खाज येता आनी कातिंतल्यान उदक तेंवेता आसत जाल्यार कणेरिच्या मुळांचो पिठो पोटांत घेतात आनी तांचो लेप त्या जाग्यार लायतात. रिकाम्या पोटार ह्या पिठाचो वापर करचो न्हय. मुतखडो जाल्यार तशेंच मुतपाक त्रास जायत जाल्यार ह्या पिठ्याचो उपेग करचो. कणेरिचें मूळ शुद्ध करून वापरप गरजेचें. तेखातीर कणेरिचीं मुळां कपड्याचे पोटलेंत बांदून तीन ते चार वरां दुदांत शिजोवचीं. उपरांत गरम उदकांत तीं धुवून सुकोवचीं आनी ताचो पिठो करून वापरचो दोळे सुजल्यार वा दोळ्यांतल्यान उदक व्हांवपाक लागल्यारय कणेरिच्या पानांचो ताजो रोस काडून घालतात. कणेरिचो वखदी वापर जाणाकाराच्या सल्ल्याबगर करचो न्ही. वखदी उपेगाक लागुनूच फकत कणेरिच्या झाडाक म्हत्व आसा अशें ना, तर हाका फुलपी फुलां चवथी दिसा गणपतीक ओंपतात हाका लागून ह्या फुलांक खाशेलें अशे म्हत्व आसा. हीं फुलां श्रीसूर्यनारायणाकूय ओंपतात.

– सं. मं.

कत्रे, लक्ष्मण माधव : कर्नाटकांतलो वायुसेनेंतलो एक वरिश्ट अधिकारी. ताचो बापूय कॅप्टन माधव हो तुरुंगाधिकारी आसलो. लक्ष्मण

सिनियर कँब्रीज परिक्षा १९४५ त पास जालो आनी तो मिलिटरी ॲकाडेमींत संरक्षण सेवेचें शिक्षण घेवंक गेलो. १९४५ त ताणें हें शिक्षण पुराय केलें. ताका सर्वोत्तम कॅडेट म्हणून भांगरा तलवार पुरस्कार फाव जालो.

ताणें भारतीय वायुसेनेच्या सातव्या, सतराव्या आनी तेविसावे तुकडेचें नेतृत्त्व केलें. तशेंच ताणें १९६५ आनी १९७१ तल्या मोहिमिनी वांटो घेतिल्लो.

ताणें वायुसेना मुखेल कार्यालयाचो सुरक्षा संचालक हैद्राबादच्या वायु ॲकाडेमिचो कमांडर, बेंगळुरच्या ए. ए. एल. चो अध्यक्ष रशियेक धाडिल्ल्या उच्च संरक्षण तुकडेचो अध्यक्ष, म्हणून काम पळयलें. भारतीय वायुसेनेचो चीफ मार्शेल म्हणून ताणे दीर्घकाळ सेवा केली.

ताका अती विशिश्ट सेवा पदक (१९७१), आनी परम विशिश्ट सेवा पदक (१९८०) हे उच्च भोवमान फाव जाले.

– सं. मं.

कत्रे, सुमित्रा मंगेश : (जल्म : ११ एप्रील १९०६, होन्नावर, कारवार, कर्नाटक)

ताणें भारतीय भाषाशास्त्रज्ञ, संस्कृत, प्राकृत, कोंकणी भाशेचें अध्ययन करून भारतांत आधुनीक, भाषाशास्त्राची बुनयाद घालपाचो तोलामोलाचो वावर केलो.

ताचें शालेय शिक्षण कारवाराक जालें, तर महाविद्यालयीन शिक्षण मंगळुरच्या गव्हर्नमेंट, कॉलेजांत जालें. १९३० वर्सा ताणें एम. ए. पदवी घेवन लंडन (स्कूल ऑफ ओरिएंटल अँड आफ्रिकन स्टडीज), बॉन (जर्मनी) आनी मद्रास (चेन्नई) ह्या विद्यापिठांत भाशाशास्त्राचो अभ्यास केलो. तशेंच संस्कृत आनी प्राकृत भाशेचोय अभ्यास केलो. ताचें उपरांत लंडन विद्यापीठाची पीएच. डी. पदवी मेळोवन तो भारतांत आयलो आनी पुण्यातल्या वाडिया (१९३३–३४), सर परशुराम भाऊ (१९३७–३९) आनी डेक्कन, १९३९–४१) ह्या महाविद्यालयांनी ताणें संस्कृत शिकयलें. मुखार डेक्कन कॉलेजीतच पदव्यूत्तर अभ्यास आनी संशोधन हाचेखातीर एक मार्गदर्शक आनी संशोधक म्हण काम केलें. ताच्या अभ्यासाचे खास विशय म्हळ्यार संस्कृत, प्राकृत, कोंकणी आनी इंडो – यूरोपियन फायलॉलॉजी अशे आसले.

संस्कृत ऐतिहासिक महाकोशाचे कत्रे, मुखेल संपादक आसलो. १९५४–६० च्या काळांत ताणें डेक्कन कॉलेजींत भाशाभ्यास हो प्रकल्प चलयलो. ह्या प्रकल्पाक रॉकफेलर प्रतिष्ठानांन आर्थीक मदत केली. तशेंच ह्या प्रकल्पाक लागून सगळ्या भारतांत आधुनीक भाशाशास्त्राच्या अध्यायनाक चालना मेळली.

कत्रे हाणें १९६३ – ६९ च्या काळांत भाशासास्त्र प्रगत अध्ययन केंद्राचे संचालक म्हण काम केलें. 'न्यू इंडियन

ॲंटिक्वेरी' ह्या नेमाळ्याचे तो संपादक आसलो. तशेंच 'लिंग्विस्टीक सोसायटी ऑफ इंडिया' ह्या संस्थेचे कोशाध्यक्ष म्हण ताणें काम केल्लें. कत्रे हाच्या कितल्याश्याच संस्थानी संक्रीय असो वांटो आसा.

कत्रेन वेगवेगळ्या व्याख्यानमाळेंत व्याखानां दिली तशें कितल्याश्याच देशविदेशी परिशदांनी भाग घेतला. ताणें शंबरावयर सोदनिबंध, परिक्षणां, व्युत्पत्ती-दर्शन अशें स्फूट लेखन केलां. 'इंट्रोडक्शन टू इंडियन टेक्स्चूअल क्रिटीसिझम' (१९४१), 'फॉर्मेशन ऑफ कोंकणी' (१९४२), 'सम प्रॉब्लेम्स ऑफ हिस्ट्रॉरिक लिंग्विस्टीक्स इन इंडो आर्यन' (१९४४) 'टू लेक्चर्स ऑन लिंग्विस्टीक्स' (१९५९), इंट्रोडक्शन टू मॉर्डर्न इंडियन लिंग्विस्टीक्स' (१९६१), 'पाणिनीयन स्टडीज' (भाग १९६४-६९) हीं तांचीं वेंचीक पुस्तकां आसात.

ताच्या 'फॉर्मेशन ऑफ कोंकणी' ह्या कोंकणी भाशेच्या संशोधनात्मक लिखाणान, कोंकणी भाशेचें ध्वनीविज्ञान, रुपविज्ञान आनी वाक्यविज्ञान हे संबंधीं शास्त्रीय अशें केल्लें विवेचन हें कोंकणी भाशेचें एक उंचेल्या पांवड्यावयलें अध्ययन आसा.

– सं. मं.

कत्रेल : घरांत दिसपट्टी लागपी गरजेच्यो वस्ती आनी जिन्नस दवरपाचो वणत कोरांतून केल्लो खण. घरांत, विशेश करून रांदचे कुडींत रांदचीं आयदणां आनी साकर, च्या पालो, पिठो, मसालो सारखे जिन्नस हाताकडेन दवरपाची सोय म्हणून वणत कोरांतून एक चवकोनी खण तयार करताले आनी गरजेप्रमाण त्या खणांत आडव्यो लाकडा फळयो घालून पोट खण करताले. सुमार ३ ते ४ फूट उंचायेच्या सुमार १ १/२ ते २ फूट रुंदायेच्या आनी सुमार ३/४ ते १ फूट खोलायेच्या ह्या कंत्रेलाक लाकडाची दारां आसतालीं. उंदीर, मांजर, जल्ल्यांपासून पदार्थ सुरक्षीत दवरपाची ही आदल्या काळांतली खाशेलीं वेवस्था आसली. बऱ्याच कंत्रेलाचीं दारां लाकडार कोरांतायल्ल्या नक्षिकामान सजयल्लीं आसतालीं आधुनीक घर मांडावळींतय खाशेलें सोबितकायेचे नदरेन अशा कंत्रेलाची सोय केल्ली दिसता आनी लाकडी दारांवांगडाच आरशांची दारांय बसयल्लीं दिसता. अशीं कंत्रेलां रांदचे कुडी वांगडाच हेर कुडिनीय बसयल्लीं दिसता. तरीय आधुनीक घर बांदावळींत वर्णिंतल्या कत्रेला सुवातेर सुटी लाकडी वा स्टिलचीं कपाटांचो वापर लोक पसंत करतात.

पुरक नोंद : कुरकूट, कोळवो.

– सं. मं.

कथा : पळयात : साहित्य कोंकणी

कदम, देविदास रामचंद्र : (जल्म : १७ सप्टेंबर १९५८, कारवार)

एक लेखक तसोच समाज कार्यकर्तो. ताचें मुळावें शिक्षण नागफोंड, सदाशिवगड-कारवार हांगाच्या

प्राथमीक शाळेंत जालें, माध्यमीक शिक्षण बाड-कारवार हांगाचे श्री शिवाजी हायस्कुलांत, बारावी मेरेनचें शिक्षण सदाशिवगड-कारवार हांगाचे शिवाजी कंपोजीट ज्युनियर कालेजींत, बी. ए. पदवी मेरेनचें शिक्षण कारवारचे गव्हर्नमेंट आर्टस् ॲण्ड सायन्स कॉलेजींत, तर बाड-कारवार हांगाचे शिवाजी कॉलेज ऑफ एज्युकेशन संस्थेंत बी. एड. शिकप पुराय केलें. तो एक शिक्षक. सध्या इंग्लीश आनी इतिहास हे दोन विशय शिकयता.

कथावांगडा, कविता, कादंबरी आनी बालसाहित्य ह्या साहित्य प्रकारांचें ताणें लिखाण केलां. ताणें पयलोच हात कथा ह्या साहित्य प्रकारांत घालो आनी आयोजीत केल्ल्या प्रत्येक कथा सर्तींतल्यान खुबशीं इनामां जोडलीं. १९९२-९३ वर्सा, 'निर्णय' ही कथा, 'राष्ट्रमत' दिवाळी अंक कथा सर्तींत उजवाडाक आयल्ली. हे कथेक दुसरें इनाम, कुळागर कथा सर्तींत 'कांदळां' ह्या कथेक दुसरें इनाम, १९९३-९४ वर्सा श्री. सरस्वती मंदिर, पणजी - गोंय, आयोजीत केल्ले कथा सर्तींत 'वेलकम् टु...' ह्या कथेक तिसरें इनाम, तशेंच १९९४-९५ वर्सा श्री सरस्वती मंदिर, पणजी-गोंय, आयोजीत केल्ले कथा सर्तींत 'परिणाम' ह्या कथेक पयलें इनाम फावो जालें.



हेच प्रेरणेंतल्यान ताणें आपलें लिखाण चालूच दवरलें. आनी १९९६ वर्सा 'कांदळां' हो पयलो कथा संग्रह उजवाडाक आयलो. अशे करून २००२ वर्सा 'कोहम्?' कविता संग्रह, २००४ वर्सा 'दिका' कादंबरी, २००६ वर्सा 'गांठवल' कादंबरी, २००७ वर्सा 'काणी आज्याली' बाल नवलिका आनी २०१० वर्सा 'उबंतर' कादंबरी उजवाडाक आयल्यात. ताच्यो कथा, कविता आनी कादंबरी वाचनीय आनी अर्थपूर्ण आशिल्ल्यान तांकां साबार पुरस्कार फावो जाल्यात. १९९६-९७ वर्सा, 'कांदळां' ह्या कथा संग्रहाक, 'कोंकणी भाशा मंडळ - गोंय' चो पुरस्कार, १९७७ वर्सा, परतून 'कांदळां' ह्या कथा संग्रहाक, 'टी. एम्. ए. पै फाउन्डेशन'चो पुरस्कार, २००२-०३ वर्सा, 'कोहम्?' ह्या कविता संग्रहाक, 'कोंकणी भाशा मंडळ - गोंय', चो पुरस्कार, २००५ वर्सा, 'दिका' ह्या कादंबरीक, 'कला अकादमी गोंय,'चो साहित्य पुरस्कार, २००७ वर्सा, परतून, 'दिका' ह्या कादंबरीक, 'केंद्रीय साहित्य अकादेमी-दिल्ली' चो पुरस्कार फावो जाल्यात.

'श्रद्धानंद ज्ञानप्रसारक मंडळ, पैंगीण, काणकोण-गोंय', 'कोंकण मराठा मंडळ, सदाशिवगड - कारवार,' 'कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव - गोंय, 'काणकोण कलाकार संघ, काणकोण - गोंय,' 'भारत विकास परिषद, काणकोण (शाखा) गोंय,' ह्या संस्थांचो तो वांगडी आशिल्ल्यान समाजकार्य, कला, भास आनी शिक्षण ह्या क्षेत्रांत, ह्या संस्थांवरवीं बरो वावर केला. तेभायर इंग्लीश विशय भुरग्यांक सोपेपणान, बरे पद्धतीन शिकोवपाचे तंत्र हेर शिक्षकांक शिकोवपाखातीर विंगड-विंगड शाळा - संकुलांक भेट दिवून, मार्गदर्शन केलां. तशेंच विंगड - विंगड शाळा - कॉलेजिंनी भुरग्यांकूय मार्गदर्शन केलां. एस्. एस्. एल्. सी. क नापास जाल्ल्या भुरग्यांक, खासाकरून

गांवगिऱ्या वाठारांतल्या भुरग्यांमेरेन वचून, ताणें मार्गदर्शन केलां. ताच्या ह्या बऱ्या कामगिरिखातीर, गांवच्या संस्थेकडल्यान ताचो भोवमान जाला.

देवीदासाच्या साहित्यांत, ताच्या जल्म गांवांचो काळी न्हंयचे देगेवयल्या, कारवार – सदाशीवगड परिसर, थंयच्या सैमीक आनी सामाजीक वैशिश्ट्यांसयत येता. ह्या परिसरांतलें सामाजीक, आर्थीक, धार्मीक आनी भावनीक विश्व ताच्या साहित्यांत प्रभावीपणान आनी अर्थ – संदर्भासयत प्रतीत जाता. तेखातीर कोंकणी साहित्यांक ताच्या साहित्यान एक आगळें योगदान घडयला.

– सं. मं.

कन्नड साहित्य (कोंकणी मनशानीं बरयेल्लें) : पळयातः साहित्य

कर्दे : रांदचे कुडिंतलें एक मातयेचें आयदन. रुंद गळ्याचें आनी रुंद बसकेचें हें आयदन आदल्या काळांत शीत वाळून येता ती पेज दवरपाक वापरताले. आदल्या काळांत बुडकुल्यांत शीत शिजयताले. शीत शिजल्याउप्रांत बुडकुल्याच्या तोंडाक पातळ साकाचो कुडको बांदून वा बुडकुल्याच्या तोंडार लाकडाची माणी (धांपणे) धापून बुडकुलो लाकडी तिकट्याचेर (Stand) तोंड सकयल आनी तळ वयर अशे अवस्थेंत दवरताले. बुडकुल्याच्या तोंडाखाला तिकट्यांत कर्दे दवरताले. साकाच्या बुराकांतल्यान तशें माणिचे खाचिंतल्यान शितांतली पेज कर्द्यांत एकठांय जाताली आनी सरसरीत शितगोटे बुडकुल्यांत उरताले. शितांतली पेज गाळपाचे हे प्रक्रियेक शीत वाळप म्हणटाले. अशे तरेन गाळिल्ली पेज जेवणावेळार एक पेय कशे पियेताले. तशेंच ती पाळीव मोनजातीक (कुत्रो, कुकडां, गोरवां, धुकर) पियोवंक दिताली.

आधुनीक काळांत प्रेशर कुकरच्या जमान्यांत शीत वाळपाची पद्दत फाटीं पडल्या. शितांतलें सत्त्व पेजेंत देंवता आनी शीत निसत्त्व जाता म्हणुनूच शीत वाळपाची पद्दत लोकांनी सोडल्या. प्रेशर कुकर येवचेपयलीं बेठें शीत शिजोवपाचो एक प्रकार वापरांत आसलो. ह्या प्रकारांत उदकाचें प्रमाण उणें आशिल्ल्यान शीत शिजलेउप्रांत पेज उरना. ह्या प्रकारांतय शीत वाळप जायना.

– सं. मं.

कन्नूर : केरळ जिल्ल्याचे एक स्थान आनी अरबी समुद्रांतले एक म्हत्वाचे बंदर. तें कालिकतच्यान ८० किमी. उत्तरेक आसून केरळांत कापड–होजिअरी धंद्याचे केंद्र आसा. हांगा प्लायवुडचो एक व्हड कारखानोय आसा. तेभायर फस्कां (आगपेटी), फर्निचर आदी उद्येग हांगा आसून काथो, खांबरें, लाकूड, मसाल्याक लागपी सामान आदी हांगाच्यान निर्यात जाता. मध्ययुगांत अरबी व्यापाऱ्यांची ही एक म्हत्वाची उतारपेट आशिल्ली. मलबारच्या इतिहासांत कन्नूराक एक म्हत्वाचे स्थान आसा. पोर्तुगीज, डच आनी इंग्लीश व्यापाऱ्यांचे हांगा वखारी आशिल्ल्यो. कन्नूर हांगाच्यान वतना लागींच लागपी तालिपरंबा ह्या गांवांत पळोवपासारकें एक भात संशोधन केंद्र आसा.

– सं. मं.

कनकदास : (इ. स. चे १६ वो शेंकडो) कर्नाटक राज्यांतलो, दासकुटांतलो एक संत कवी. पुरंदरदासाउपरांत (इ. स. १४८४-१५६४) तो लोकप्रिय जालो. धारवाड जिल्ल्यांतल्या बाड ह्या गांवांत ताचो जल्म जालो. ताचें मूळ नांव तिम्मप्पा आशिल्लें. अशें म्हणटात, की एक दीस तो शेतांत खणाटालो. खणटा खणटा ताका भांगराच्या नाण्यांनी भरिल्लो हांडो मेळ्ळो आनी तेन्नासावन लोक ताका कनकनायक म्हणून पाचारपाक लागले. उपरांत दासपरंपरेंत येतकच तो कनकदास जालो. तो जातीन धनगर वा भिल्ल आशिल्लो, अशीं दोन मतां आसात. तो एका राजाच्या सैन्यांत दाखल जालो आनी तो सेनापतीच्या पदां मेरेन पाविल्लो. सैन्यांत आसतनाच एके राती ताच्या सपनांत चेन्नकेशव आयिल्लो. ताणें ताका आपलो दास जावपाचो आदेश दिल्लो, पूण कनकदासाक पडिल्लें सपनाचेर ताणें व्हडलेंशें लक्ष दिलें ना. उपरांत एका झुजांत ताचो जबरदस्त पराभव जालो आनी तेवेळार ताका चेन्नकेशवाच्या आज्ञेचें स्मरण जालें. उपरांत तो रोकडोच सैन्यांतल्यान निवृत्त जालो आनी उडुपींत येवन व्यासरायाचो शिश्य जालो. तो कितलीशींच वर्सां व्यासरायाची सेवा करीत आशिल्लो, पूण तो हीन जातीचो आशिल्ल्यान थंयचे कट्टर ब्रह्मण गांवांतल्या श्रीकृष्ण देवळांत ताका प्रवेश करपाक दिनाशिल्ले.

एके रातीं कनकदास देवळाच्या पश्चमी दिकेक आशिल्ले एके वणटी भायर बसून कृष्णस्तुती गावपाक लागलो. रातभर तो तंबोऱ्याच्या तालार कृष्मभक्तीची म्होंवाळ पदां गावपाक लागलो, आनी श्रीकृष्ण तीं पदां आयकतालो. दुसऱ्या दिसा सकाळी भट देवळांत आयलो, तर कृष्णाची मुर्ती पूर्व दिकेक तोंड करून आशिल्ली, ती पश्चिम दिकेक तोंड करून रावल्या, हें ताच्या नदरेक पडलें. हो चमत्कार कनकदासाक लागून घडला, हें लोकांक पटलें. उपरांत देवळाची पश्चीम दिकेक आशिल्ली वणट फोडून जनेल केलें. आयजूय ती 'कनकन किंडी' ह्या नांवान थंय दिसता.

कनकदास मध्वाचार्यांच्या वैष्णव पंथांत प्रविष्ट जालो आसलो, तरी तो आपले विचार स्वतंत्रपणान मांडटालो. ताणें जाती भेद आनी सामाजीक दोश हांचेर खर टिका केल्यात. तो एक कडेन उल्लेख करतना विचारता : "चिखलांतल्यान उत्पन्न जावपी साळक (कमळ) देवाक ओपिनात? गायच्या रगत - मांसांतल्यान उत्पन्न जावपी दूद भट पियेनात? म्हाका सांगात, नारायण देवाचे कूळ खंयचे? सज्जनांच्याच कुळाची चर्चा कित्याक करची?" (कनकदासर कीर्तन भाग १)

कनकदासाच्या काळार कर्नाटकांत शक्तिपुजेचें बरेंच वर्चस्व आशिल्लें, अशें दिसता. लोक नाका ते प्रकारची आराधना करताले आनी पशुबळी समर्पीत करताले. कनकदासाक तें आवडलें ना. ताणें अशे पुजेचे खंडन करून फकत एका नारायणाचीच पुजा करपाक सांगली. कनकदास हो सर्वसमर्पणात्मक भक्तीचो पुरस्कर्तो आशिल्लो. ताणें हजारावयर पदां रचलीं आनी नरसिंहस्तोत्र, मोहनतरंगिणी, रामध्यान - मंत्र, हरिभक्तिसार आनी नळचरित्रां अशीं पांच काव्यांय निर्मिलीं. तो आपलीं गितां एका सुरार म्हणत सगळ्याक भोंवतालो. ताच्या गितांत वेलपुडिकेशव ही नांवमुद्रा जोडिल्ली आसता. कनकदास १०० वर्सां जियेलो अशें मानतात.

उडपी शारांत कृष्णमंदिरांत, कनकदासाचें म्हत्व सांगपी कांय प्रतिकां आसात. तांचे मंदीं कनक गोपूर, कनक मंदीर, कनकदास मुर्ती आनी कनकन

किंडी, हीं आसात. कनकन किंडी जातुंतल्यान कनकदासाक श्रीकृष्णान दर्शन दिलें, तें किंडिंतल्यान भावीक लोक कृष्णाचे दर्शन पयलीं घेतात आनी मागीर देवळांत वतात. पर्याय उत्सवावेळार, पिठाधिकार घेवपी अष्टमठांतलो स्वामी देवळांत वचचें पयलीं कनकन किंडिंतल्यान कृष्णाचे दर्शन घेता.

अशी एक आख्यायिका आसा, की कनकदासान तांदळा पेज आनी तांदळा रोटी हाचो निवेद श्रीकृष्ण देवाक दाखयलो. हो निवेद देवान भक्षण केल्लो. कनकदासाची श्रीकृष्ण भक्तीची याद म्हणून आयजय देवाक हेर पक्कान्ना वांगडा तांदळा रोटी आनी तांदळा पेज निवेद म्हूण दाखयतात.

– सं. मं.

कपयाळें : कपड्याच्या कपयाचें (कुडक्याचें) तयार केल्लें चादरीसारखें वस्त्र. हें वस्त्र तयार करपाक जायत्यो कपयो वापरता जाल्ल्यान ताका कपयाळें म्हणटात. ह्यो कपयो वापरून जाल्ल्या पोन्न्या कपड्यांचे (कापड, साडी, शर्ट, खोमशी, चादर) बरेशे कुडके घेवन करतात. ह्या कुडक्यांक एकेवटेन बरो रंग आनी दुसरेवटेन उणो रंग आशिल्ल्यान, कपयाळाच्या दोनय वटांनी कुडके शिंवता. अशें केल्यान एक तर ताका दाटाय येता. दुसरें, कपयो शिंवता ताची शिलाय दोनय वटी मर्दीं उरुन लिंपता आनी, दोनय कडच्यान ताका सोबसारकें रंगयाळें रूप येता.

वापरून जाल्ल्या पूण शाबूत उरिल्ल्या कपड्याचो उपेग करपाच्या उद्देशान कपयाळीं शिंवपाची कल्पना आयल्या आसूं येता. अशेंच वापरून जाल्ल्या चादरींची एकठांय शिलाय करून, गोजडी (दाट चादरीसारकें वस्त्र) करपाचे कल्पनेप्रमाण तेंच पद्धतिची कपयाळें शिंवप जालां आसूं येता. मुळांत पोन्न्यां कपड्यांचो उपेग करपांतल्यान ही कल्पना मुखार आयली आसली तरी, आतां कपयाळीं शिवताना नवें कपडे वापरतात. तशेंच आतां खासा डिझायन केल्लीं आनी नव्या नव्या आकृती (नखेत्र, फूल, स्वस्तीक, सुकणीं) दाखोवपी खाशेलीं कपयाळीं तयार करतात. अशीं कपयाळीं शिंवपी आतां खासा लोकय तयार जाल्यात. अशीं कपयाळीं आतां तयार रुपांत बाजारांत विक्रेखातीर उपलब्ध आसात.

कपयाळें हाचो आकार चादरीपरस ल्हान आनी तुवाल्यापरस व्हड आसता आनी ताचो वापर चडसो ल्हान भुरग्याचें आंग धांपपाखातीर वापरता.

पुरक नोंद : गोजडी

– सं. मं.

कपिलेश्वर देवस्थान : कपिलेश्वर हें नांव शंकर देवाचें. शंकर देवाक ईश्वर अशेंय म्हणटात. ताचें प्रतीक लिंग आशिल्ल्यान ताका लिंगरूपान पुजतात.

ताका कपिलेश्वर हें नांव कशें पडलें हें विशीं एक आख्यायिका आसा : कवळें आनी फोंडे हांचे मजगतीं सद्या आशिल्ल्या देवळामुखावेल्या प्रकारा भायर तेन्ना बरीच व्हड तळी आशिल्ली. तातूंत एक पाशाणी शिवलिंग आशिल्लें आनी ताचें भोंवतणी सुंदर धवीं कमळां फुलतालीं. एकदां कपिल नांवाचो एक राजा थंय पावलो. तो शिवभक्त आशिल्लो, ताका दिसलें, तळ्यांतलें तें पाशाणी लिंग काडून, देवूळ बांदून तातूंत तें स्थापन करचें. तें प्रमाण ताणें तें व्हडलें तळें पुरोवन ताचेर देवूळ बांदलें आनी तातूंत लिंग स्थापन

२४८

केलें आनी ताका कपिलेश्वर अशें नांव दवरलें. खरें म्हळ्यार कवळें गांवचो हो एक भाग, पूण त्या वाड्याक सद्या कपिलेश्वरी अशें म्हणटात.

कपिलेश्वर हें नांव कशें पडलें, हाचेविशीं आनीक एक मत आसा. कवळें ह्या गांवाक कपिलग्राम अशें वेगळें नांव आसा. कवळें (कपिलाग्राम) गांव ज्या काळांत मूळ वसणुकेक आयलो त्याच काळांत ही वसणूक केल्ल्या लोकांनी आपलो ग्रामदेव स्थापन केल्लो जावंक जाय आनी त्या ग्रामदेवाक कपिलेश्वर हें नांव दिलां आसूंक जांय.

१३४८ वर्सा आदीं सावन, कपिलेश्वर देव हेच सुवातेर आशिल्लो असो पुरावो एका तांब्यापट्यावरवीं मेळटा. ह्या देवाक आनीक पंचायतन देव आसात, तांची नांवां अशीं आसात – श्री गणपती, श्री भगवती, श्री बेताळ, श्री कमलेश्वर, श्री गोविंद. हांची स्थापणूक वेगवेगळ्या स्वतंत्र देवळांनी केल्ली आसा.

कवळें आनी फोंडे हांचे मजगतीं कपिलेश्वर नांवाच्या देवाचें देवूळ आसा. फोंड्यासावन कवळें वचपाच्या रस्त्याचेर दावेवटेन मुखेल रस्त्याचे उबारेपरस देड मी. उंच श्री कपिलेश्वर देवस्थानाचो प्रकार आसा. प्रकाराभायर एक तळी आसा. प्रकाराक रस्त्याचेवटेन सुंदर फातरांचें दुरीग आसा आनी ताका व्हडलें कमानी रुंद प्रवेशदार आसा. ह्या दाराभितर सरतकच उजवेवेटन विस्तीर्ण अशें श्री कपिलेश्वर देवाचें उंच देवूळ आसा. देवळांत हो देव पाशाणी लिंगरुपांत आसा. सकाळीं ताची पूजा, अभिषेक जातकच दनपरां ताची महापूजा करून, महाआरती, जावचे पयलीं लिंगाचेर रुप्याचें कवच घालतात.

पुर्विल्ल्या काळांत ज्या लोकांनी कवळे गांव वसणुकके हाडलो, ताणें कवळे ग्रामसंस्था स्थापन



श्री कपिलेश्वर देव

करून कपिलेश्वर ग्रामदेवाची थापणूक केली.

देखुनूच कवळें ग्रामसंस्थेचे आनी कपिलेश्वर देवस्थानाचे आद्यसंस्थापक एकूच आसात.

कपिलेश्वर देवळाचे घटना नेमावळींत चार वांगडांचो उल्लेख आसा. पयलो वांगड 'भारद्वाज' गोत्राचो तातूंत 'ढवळकर' उपनांवाचे कुळावी आसात. दुसरो वांगड 'जमदग्नी' आनी 'वत्स' गोत्रांचो. तातूंत कुमार देसकर उपनांवाचे कुळावी आसात. तिसरो वांगड 'कौशिक' गोत्राचो तातूंत बुकले वा बखले ह्या उपनांवाचे कुळावी आसात. आनी चवथो वांगड 'वत्स' गोत्राचो. हातूंत 'कुलकर्णी', 'कवळेकर' ह्या उपनांवाचे कुळावी आसात. पयले तीन वांगड पद्ये ब्राह्मण आसून चवथ्या वांगडाचे कुळावी गौड

सारस्वत ब्राह्मण आसात.

श्री कपिलेश्वर देवाचो मुखेल वर्सुकी जात्रा उत्सव कार्तीक वद्य चतुर्दशी दिसा सुरू जाता. आनी स दीस चलता. प्रत्यक्षांत ही जात्रा मार्गशीर्ष शूक्ल तृतीये मेरेन आसता. पूण हे जात्रेचो मुखेल दीस म्हळ्यार कार्तीक उमास आसा. २००९ वर्सा ह्या देवळाचो जिर्णोद्धार करून ताका नवो रुपकार दिला.

– सं. मं.

कपेल : पळयात : इगर्ज

कबड्डी : एक मैदानी खेळ : मुखेलपणान गांवगिऱ्या वाठारांत हो खेळ खेळटात आसले, तरीय आज हो खेळ त्या पांवड्यार उरूंक ना. गोंयांत राज्य पावंड्यार ह्या खेळाच्यो सर्ती जातात. कांय वर्सां फाटीं तो आशिया खंडांतल्या आशियाई खेळांत पाविल्लो आसा.

खेळाचे प्रकार : कांय कडेन ह्या खेळाक 'हुतूतू' अशेंय म्हणटात. हो मैदानी आनी सांघीक खेळ ७/७ जाणांच्या पंगडान खेळटात. त्याभायर ३/३ खेळगडे राखीव दवरतात. हो खेळ बरोच ताकदिचो आनी झगड्यासारखो आशिल्यान खंयचोय गडी जखमी जालो जाल्यार ताच्या जाग्यार खेळोवंक हे तीन गडे राखीव आसतात.

खेळाक लागपी वेळ : दोन पंगडाक २०–२० अशी ४० मिनटां आसतात. मर्दी ५ मिनटांचो विसव आसता.

पिराय आनी लिंग गट : १० वर्सां वयले चले-चलयो हो खेळ खेळटात.

नेम आनी अटी : १) ह्या खेळाक आखिल्लें मैदान आसता. तें ४२X२३ फुटांचे आसता. २) ताका तीन आडव्यो वळी (लायनी) आसतात. एक मदली शीम. आदले शिमेसांवन दोनय वटांनी १ फुटांचेर स्पर्शवळी आसतात. ३) चडाय करून वचपी खेळगड्याक हे वळीक स्पर्श करूनच परत येवचो पडटा. ४) दोनय वटांनी एक/एक फुटांचें राखीव जागो दवरतात. हो ४२ फुटांवटेन आसता. ५) चडाय करपी खेळगडो मदले शिमेसांवन 'कबड्डी' वा 'हुतूतू'चो सूर धरता.



आनी परततना परत तेच शिमेर येवन सोडटा. मदीं सूर सोडल्यार तो बाद जाता.

खेळपाची पद्धत/रीत : दोगूय पंगड मैदानार आपआपलो जागो घेतात. एक गडी मदले शिमेसांवन सूर धरून विरुद्ध पंगडाच्या अर्दान वता. आनी स्पर्शवळीक स्पर्श करता, तेन्ना विरोधी पंगडाचे खेळगडे ताका धरपाचो यत्न करतात. सूर धरिल्लो सूर सोडिनासतना तांकां हातान वा पांयान बाद करपाचो यत्न करता. खंयच्याय गड्याक हात वा पांय लावन सूर सोडी नासतना तो मदले शिमेमेरेन पावता तेन्ना ताणें स्पर्श केल्लो गडी बाद जाता. ह्या वेळार तो जितल्या खेळगड्यांक स्पर्श करता तितलेय गडे बाद जातात. तो तांकां बाद करतासतना ताणीं ताका सूर सोपसर घट्ट धरून दवल्लो जाल्यार तो बाद जाता.

उपरांत दुसरे वटेचो गडी 'कबड्डी' वा 'हुतूतू'चो सूर धरून चडाय करून वता. खंयचेय वटेचो गडी बाद जाता तेन्ना विरुद्ध पंगडाक गूण मेळटा. तशेंच सूर धरून गेल्लो गडी स्पर्श वळीक स्पर्श करूंक शकलो ना जाल्यार तो बाद जाता. आनी विरूद्ध पंगडाक गूण मेळटा.

खंयच्याय पंगडाचे सगले गडे बाद जातात तेन्ना विरुद्ध पंगडाक थारावन दिल्लें बोनस गूण मेळटात. २०-२० मिनटांचो खेळ जाल्या उपरांत शेवटाक ज्या पंगडाचे गूण चड तो पंगड जैतिवंत जाता.

कबड्डी हो खेळ वेगवेगळे कडेन वेगवेगळे तरेन खेळटात.

१) संजिवनी पद्धत : हातूंत जेन्ना पंगडाचो खेळगडो बाद जाता तेन्ना विरुद्ध पंगडाचो बाद जाल्लो खेळगडो जिवो जाता आनी खेळांत भाग घेता.

२) गनिमी पद्धत : हातूंत एके खेपे बाद जाल्लो खेळगडो लोण जाय मेरेन - म्हळ्यार सगलो पंगड बाद जाय मेरेन जिवो जायना वा खेळूंक शकना.

३) अमेर पद्धत : बाद जाल्लो खेळगडो खेळांत भाग घेवंक शकना पूण त्या खातीर विरुद्ध पंगडाक गूण मेळटा. हेर सगळो खेळ सारको आसता.

फायदो : १) हो खेळ आंगाक ताकद हाडटा. भरपूर व्यायाम घडयता. २) शत्रू पक्षाचेर चडाय कशी करप, आनी उपरांत सुखरुप परत कसो येवप हाची कळाशी ह्या खेळान येता. ३) चडाय करून येवपी शत्रूक कसो धरप हेंवय ह्या खेळांतल्यान शिकूंक मेळटा. ४) शत्रू पक्षा सांवन स्वतःची राखण करतनाच ताका बाद कसो करप हाची देख त्या खेळा उदेशीं आमकां मेळटा.

– एन्. सुहास

कबूतर (पारवो) : कोलंबिडी ह्या पक्षिकुळांत कबुतराचो समावेश जाता. कबुरतराच्यो कितल्योश्योच जंगली आनी पाळीव जाती आसून त्यो सगळ्यो पाख्यापसून जल्माक आयल्यात अशे चार्ल्स डार्विन हाणें सगळ्यामुखार हाडले. कबुतरां चडशीं सगळ्या भागांत आसतात. थंड प्रदेशांत मर्यादीत अशी आसता. पूण ऑस्ट्रेलियांत जितले, खूब तराचे प्रकार दिसतात तितले हेर देशांनी दिश्टी पडनात. कबुतराचे खूब तरांचे आकार आसतात. खूब ल्हान चांडोलायेदें आसता. तर व्हडल्यांत व्हड टर्कीपक्षाच्या मादीयेदें आसता.

कबुतराचे शरिराचेर दाट आनी मोव पिसां आसून ताचे आंग गुबगुबीत आनी अशीर आसता. तकली ल्हान आसता. पांखां आखूड वा लांब आसतात. शेपूट तोंकदार आसून ताची लांबी गोलसर, बोधट, ल्हान व्हड अशी आसता. कबुतराची चोंच ल्हान, तोंकाकडेन घट्ट आसतात पूण कांय भूचर जातींत ते लांब आसतात. कांय जातींत मादी नरापरस

थोडी मळकट रंगाची आसता. चडश्या जातिचे नर आनी मादी पळोवंक सारखेच दिसतात. पूण कांय जातिच्या नराचो रंग मादिच्या रंगापरस सामकोच वेगळो दिसता.

चडशे जातिंतले कबूतर झाडांनी रावतात पूण कांय जमनीर रावपी आसतात.

कबुतराचे मुखेल खाण म्हळ्यार धान्य, बी, फळां, कळे, आनी कसलेय शाकेचे जिन्नस खातात. पूण चडशे ल्हान-ल्हान गोगलगाय वा हेर अपृष्ठवंशी (फाटीर कणो नाशिल्लो) प्राणी खातात. हांच्या अन्न पुटांन दोन पिशव्यो आशिल्ल्यान तातूंत कितलेशेंच जेवण साठोवन दवरपाक मेळटा. चडश्या कबुतराच्या आहार नळयेंत जेवण बारीक जावपाखातीर एक घट्ट अशे स्नायूमय भाग आसता. ताका 'पेषणी' अशें म्हणटात. आतडें लांब पूण अशीर आसता. उदक दिवपाखातीर कबुतर उदकांत चोच बुडोवन उदक ओडून घेता.



चडशी कबुतरां शिरकुट्यो, मुळां अशे घट्ट जिन्नस विणून घोंटेर करतात. नर सगळें सामान हाडून दिता आनी मादी एकटीच घोंटेर बांदता. मादी एक वा दोन अशी धवीं तांतयां घालता. तांतयांक दोगांय ऊब दितात. नर आनी मादी ह्यो दोगूय आपल्या अन्न कोशांत खाल्लें जेवण साठोवन दवरून पिलां खातीर कांय दीस खाद्य म्हण दवरतात.

कबूतर घूं घूं असो आवाज काडतात आनी तो काडटाना तांची मान फुगता. पूण कांय कबुतरां असो आवाज काडिनासतना शिंवोणी घातल्याभशेन कसलोसोच आवाज काडटात.

कबुतराचे मांस खूब रूचीक आसता. कांय लोक ते मांस जेवणावांगडा रुचीन जेवतात.

कबूतर हें संदेश पावोवपी सुकणें म्हण ताची वळख आसा. अशें म्हणटात की, महंमद पैगंबराक ईश्वराचो संदेश कबुतराकडसूनच पाविल्लो, तशेंच ख्रिस्ती लोकांच्या धर्मयुद्धाचो संदेशय कबुतरानच पावयल्लो. अकबराकडेन २० हजार संदेश पावोवपी कबुतरां आशिल्लीं अशें म्हणटात. तशेंच फ्रान्सांत जाल्या क्रांतिवेळार संदेश पावोवपी कबुतराचो उपयोग जाल्लो. कबुतरावरवीं संदेश धाडिल्ल्याचे जायते संदर्भ पुराणांनी आनी इतिहासीक ग्रंथानी मेळटात.

कबुतराचे कितलेशेच प्रकार आसात. गिर्रेबाज, लक्का, जॅकोबिन, शिराजी, खैरी, बांडी, लाल, लोटन पायमोजी, चुडेल, चीना, बुदबुदा, तुरमची आदी तशेंच कबुतराच्यो कितल्योच जाती आसात. पाचव्या रंगाचे कबूतर पळोवंक खूब सुंदर आसून ताका संस्कृत भाशेंत हरितालक आनी हिंदींत हरियल म्हणटात. ताचें शास्त्रीय नांव ट्रेरॉन फीनिकॉप्टेस अशें आसा. हेर कबुतराभशेनच हें मोठे आसून गुबगुबीत आसता.

तांचो आवाज मधूर असो शिवोणी घातिल्यासारखो आसता. तांची वीण मार्चपसून जूनमेरेन आसता. ताचें घोंटेर हेर कबुतराच्या घोटेरांभशेनूच आसून झाडाचेर सु. ६ मी. वयर आसता.

आदल्या काळार कबुतराक अशूभ मानताले. पुराणांतय ह्या सुकण्याक अशूभ मानताले.

ग्रीक कथेंत कबुतर सौंदर्यदेवतेचो आवडटें शेवणें म्हण मानताले. पाश्चिमात्य लोकांनी कबुतराक शांतीचें प्रतीक मानलां. प्रादेशीक वा संसारीक शांतीचो संदेश दिवपी कार्यावळींत मानेस्तांच्या हातांतल्यान कबुतरां मळबांत सोडपाची प्रथा आसा.

कबुतर सर्ती : (कबुतर–बाजी) कबुतर हें सुकणें एकदां उडत गेल्ले वाटेची वळख बरी दवरता. ताच्या ह्या खाशेल्या गुणाक लागून, आदल्या काळांत कबुतरांचो वापर एका जाग्यावयल्यान दुसऱ्या जाग्यार संदेश धाडपाक जातालो. ह्याच ताच्या गुणाक लागून कांय शारांनी कबुतर – सर्ती आयोजीत करतात. हे सर्तींत कबूतरांक तांच्या राबित्याचे सुवातिवयल्यान सर्तीचे सुवातिमेरेन कसल्यातरी वाहनांतल्यान व्हरता आनी थंय तांकां मेकळीं सोडटात. सोडचेपयलीं प्रत्येक कबुतराच्या आंगाक ताची वळख सांगपी कुरु बांदता. उप्रांत कबुतरां मळबांतले सूर्य, चंद्र, नखेत्रां, वारें आनी धर्तरेवयल्या खास गुणधर्मांचे वळखीन पर्थून राबित्याचे सुवातेर परतता. जें कबुतर उण्यात उण्या काळांत परतता त्या कबुतराक सर्तिचें जैतिवंत मानतात.

हे सर्तींत वांटेकार केल्लीं सगळींच कबुतरां आपल्या मूळ राबित्याचेर परतूंक पावना. धा जाणांतलीं एक – दोनच परतता. बाकिचें मदीं वाटेर खंय तरी शेणटा वा आपली जीव वगडायता. मोबायल फोनांचे टॉवर, वा तत्सम बांदावळींक लागून तांची दिकाभूल जावंन तीं परतिची वाट विसरतात. तशेंच कांयजाणां गिदां, घोणी सारक्यां पक्षांचे भकीक पडटात.

आदल्या काळांत आग्रा, हैद्राबाद, दिल्ली, लखनवचे नवाब अशो कबुतराच्यो सर्ती लायताले. तांचे खातीर तो एक मनोरंजनाचे, छंद आसलो. आधुनीक काळांत चेन्नय (तामिळनाडू), कलकत्ता (बंगाल), बंगलोर (कर्नाटक), कोईमतूर (केरळ) अशा शारांनी कबुतर–सर्ती आयोजीत करपी क्लब आसात. चेन्नय शारांत 'ऑल इंडिया रेसींग पिजियन्स फेडेरेशन' ही राश्ट्रीय संस्था कार्यरत आसा.

पारवे (कबुतरां) एकमेकांक घस्टून जोडयेन वावुरतात. ताचेवयल्यान कोणय दोन मनशां एकमेकां सांगातान, लागींच्यान वावुरता तेन्ना तांकां 'पारव्यां जोडी' म्हणटात.

– सं. मं.

कमर पटो : कमराक घालपाची एक वस्त (अलंकार). ही वस्त चडशी भांगराची आसता आनी बायलां ती आपल्या न्हेसणाचेर कमराभोंवतणी

बांदता. ही वस्त पट्यासारकी रुंद आनी तिचेर किमती खडे तशी हेर कारागिरी आसता जाल्ल्यान, तिचें मोल खूप व्हड आसता. तेखातीर हो अलंकार गिरेस्त बायलांच्या कमरारच दिसता. आदल्या तेंपार हो अलंकार गिरेस्त बायलांच्या कमरार तसो देव-देवतांच्या कमरार दिसतालो. हालिंसरां मनशांच्या वापरांत तो उणो जायत चल्ला. पूण देव-देवतांच्या मुर्तींच्या सजावटींत तो आजय घोळणुकेंत उरला.

कमराक अलंकार घालप हो आंगभर अलंकार घालून कूड सजोवप ह्या उद्देशान आयला आसलें तरी कमराच्या कमरपट्याचो उपेग, कांय आवतां कमराक खोवपाखातीरय जाल्लो दिसता. इतिहासीक आनी पुराणीक काळांतले सैनीक जुजारी शस्त्रां हाताक लागीं अशा कमरपट्यांत खोयताले. आजय पुलीस, सैनीक, सुरक्षा - रक्षक अशीं शस्त्रां कमराक बांदिल्ल्या चामडी पट्ट्याक खोयतात.

पुरक नोंद : काण

- सं. मं.

कयपंजी : एके खाशेले पद्दतिची पणटी. हे पणटेंत वात पेटोवपाखातीर, सर्वसादारण पणटेसारकी, रिती सुवात (पोकळी) आसता. तेभायर पणटेचे रिते सुवातीक तेंकूनच, जादा तेल सांठोवन दवरपाचें आयदन आसता. कमपंजेची एकंदर रचणूक अशी केल्ली आसता की ती पळोवपाक तेल सांठोवन दवरपाचे आयदन आनी हेर पणट्यो, दिवल्यो वा तत्सम तेला-दिवे पेटोवपाचें एक साधन, कशें दिसता. ताचे फाटले वटेन ताका धरपाची मूठ आनी फुडले वटेन वात पेटोवपाची पोकळ सुवात, आनी मदीं तेल साठोवपाचें आयदन आनी तातूंत एक पळी अशी थंय वेवस्था आसता.

कयपंजिचो उपेग हो मुखेलपणान, हेर पणट्यो, दिवल्यो वा तत्सम दिवे पेटोवपाक आनी तांकां तेलाची पुरवण करपाखातीर करप जाता. ताका आशिल्ले फुडले वटेनचे पणटेन हेर दिव्यांच्यो वाती

पेटोवप जाता आनी तेलाच्या आयदनांतलें तेल पळीचो वापर करून हेर दिव्यांनी घालप जाता.

आदल्या काळांत धार्मीक - विधींनी वा शुभ-कार्यांनी कार्याक लागपी तेला-दिवे कयपंजिचे पेट्टे वातीन पेटयताले. आता कयपंजिचो वापर आदल्यावरी सर्रास जायना. तिचे सुवातेर एकारत वा सुटसुटीत अशे मेणवातीन दिवे पेटोवप जाता. तरीय एक परंपरा म्हणून वा पुराण - वस्तुचें प्रदर्शन म्हणून कांयकडेन कयपंजिचो वापर जाल्लो दिसता.

- सं. मं.

करडी : (संस्कृत - कुशुंभा, गुजराती - कुसुंबी, कन्नड - कुसुन्बे, मराठी - करडई, हिंदी - कऱ्हा, इंग्लीश - अमेरिकन सॅफ्रॉन, लॅटीन - Carthamus tinetorius (Asteraceae) करडीं एक रानटी वनस्पत. दोंगराच्या मुळसणाक शेतांचे देगेग जावपी एक ल्हान वनस्पत. बारीक पानां आनी बियो आशिल्लीं तुऱ्यानीं हाका फुलां जाता. हाच्यो बियों ६ ते ७ मि. मी. आसता. करडिच्या फुलांक कांटे आसता तशेंच तांकां बी येतकच तयार जाल्ले

बोंडेय कांटयारे आसता.

करडिच्या उत्पादनांत भारत देश दुसऱ्या सुवातेर आसा. मॅक्सिकोंत हाचें उत्पादन चड प्रमाणांत मेळटा. भारतांत आंध्रप्रदेश, कर्नाटक, गुजरात, तमिळनाडू, मध्यप्रदेश, महाराष्ट्र ह्या राज्यांतल्यान तेल बियांखातीर करडिचे पीक घेतात.

करडिच्या बियांपासून खावपाखातीर तेलाचो



उपेग करतात. तशेंच दिवलेनीं, पंट्यांनी घालपाक ह्या तेलाचो उपेग जाता. ह्या तेलाक सुकपाचो गूण आशिल्ल्यान हाचो वापर रंग रंगोवपाकूय वापरतात. तशेंच रबर उद्योगांतूय ह्या तेलाचो उपेग जाता.

भिकणां, तीळ आनी करडिच्यो बियो एकठांय करून गोड तेल तयार करतात. केंसांक लावपाखातीर 'मॅकॅस्सॉर' (macassor oil) तेलांत करडिचें तेल वापरतात. तेभायर शाबू करपाक वापरता. करडिच्या पानांत लोह आनी कॅरोटिक चड प्रमाणान आसता, तेखातीर करडिच्या पाल्याची भाजीय करतात.

घाव्यांच्या घावांचेर तशेंच संधिवात सारक्या दुखापतिचेर उपचाराखातीर ह्या तेलाचो वापर करतात. कामीण, खरोज, पोटखणें, लूत, थंडी ह्या पिडांचेर करडिच्या बियांचो आनी पाल्याचो वखदी उपेग जाता. हातुंतलो खंयचोय उपाय करचे पयलीं वैजाचें मार्गदर्शन घेवप गरजेचें आसा.

करडिच्या फुलांचे तुरे चवथीक माटोळेक बांदतात.

– सं. मं.

करंडे, रामचंद्र वामन (फोंडुशास्त्री)

: (जल्म : १८६४, माशेल, गोंय, मरण १९४६ माशेल, गोंय)

करंडे हाका, 'फोंडुशास्त्री' ह्या नांवान वळखताले. तशेंच 'रामचंद्र' ह्या नांवान दोन रकार आसले. म्हण ताणें 'द्विरेफ' हें टोपण नांव घेतलें. आनी द्विरेफ हाची अर्थ भोंवर असो जाता. देखून ताणें फुडें 'गुंजारव' हें टोपण नांव घेवन फुडें चाळीस वर्सां बरप केलें.

फोंडुशास्त्री, हो एक गोंयचो सुदारणावादी आनी शैलिकार साहित्यीक आसलो. ताचें घराणें वेदविद्या आनी वैजकी शास्त्राबद्दल प्रसिद्ध आसलें.

वेदविद्या आनी वैजकी शास्त्र, हें दोनूय विशय घेवन तो खांपो तज्ञ जालो.

ज्योतिशशास्त्राचो आनी धर्म कर्मातल्या विधिंचो जो तांत्रीक भाग आसता. ताचो ताणें खोलायेन अभ्यास केलो. धर्मशास्त्रावेल्या ग्रंथांचे वाचन केलें. अशे तरेन संस्कृत, साहित्य, धर्मशास्त्र, कर्मकांड, आयुर्वेद आनी ज्योतिशशास्त्र ह्या विशयांचो अभ्यास करून ताणें शास्त्री ही पदवी मेळयली. ताणें आपल्या बरपावळिंतल्यान सगळे विशय हाताळ्ळ्यात, तरी

शिक्षण प्रसाराचेर ताचो चड भर आसलो. ताचें शिक्षण जरी आदल्या काळाचे आसलें तरी तो एक सुदारक आसलो.

नेमाळ्यांतल्यान तो वैचारीक लिखाण करतालो. सुमार १८९४ वर्सा 'हितचिंतक' ह्या पणजेसांवन येवपी सातोळ्यांतल्यान 'द्विरेफ' ह्या टोपण नांवान ताणें समाजीक विशयाचेर बरोवंक सुरवात केली.

गोंयांतल्या म्हत्वाच्या अशा नेमाळ्यांनी ताणें बरपावळ केल्ली आसली तरी साहित्याच्या मळावेलो ताचो खरो वावर 'सत्संग' ह्या नेमाळ्यांतल्यान जालो.

१९०१ ह्या वर्सा कुंभारजुवें वाठारांत श्रीनिवास लखू भांडारे, हांचे मालकिच्या छापखान्यांतल्यान करंडेशास्त्रिच्या संपादकपणखाला 'सत्संग' नेमाळें येवंक लागलें, आनी ताचो प्रसार गोंयां तशें गोंयांभायर महाराश्ट्रांत लेगीत जाल्लो. कितल्याश्याच लेखकांनी समजयल्ले 'सत्संग' हें नेमाळें खूब बरें चल्लें. सुमार ८ वर्सा मेरेन ते चल्लें. फुडें 'सत्संग' ह्या नेमाळ्यांतल्यान 'तोच मी' ह्या टोपण नांवान फोंडुशास्त्रीन कविता बरोवंक सुरवात केली. पूण कवितेपरस ताचें गद्य बरप चड बरें थारलें.

ताचे खाशेले शैलीक लागून ताका पयलो मराठी शैलिकार साहित्यीक अशें म्हणटात.

रसाळ, रुपक, उपमा अलंकारान भरिल्ली वैशिष्ट्या शास्त्रिच्या लिखाणांत प्रामुख्यान दिश्टी पडटालीं.

शास्त्रीन आपल्या बरपावळिंतल्यान सगळें विशय हाताळळ्यात, तरी शिक्षण प्रसाराचेर ताचो चड भर आशिल्लो. जाय ते फावट ताणें ह्या विशयाचेर तळमळीन बरप केलां. पारतंत्र्याविशीं ताची खंत ताच्या बरपांतल्यान जाणवताली. ताच्या बरपाचे शैलिंतले उपरोध, उपहास आनी नर्मविनोद हीं आंगां उक्तीं जातालीं.

बायलांक शिक्षण दिवपाविशीं तो उर्बा दितालो. हिंदू धर्मातल्यो जाती-पाती, भुरगेपणांत लग्न, पोटजातिंतलीं लग्नां, परदेश गमन ह्या विशयांचेर ताची मतां सुदारणावादी आशिल्लीं.

इतले सगळें बरोवन लेगीत शास्त्रिचें 'कैवल्यपूरम मठाचा इतिहास' हें एकूच पूस्तक उजवाडाक आयलां.

– सं. मं.

करंज : (मराठी : करंज, हिंदी : करंज, संस्कृत : करंज, गुजराती : करंज, कन्नड : कानगा, इंग्लीश : इंडियन बीच)

एक वखदी वनस्पत. सुमार १८ मी उंचायेचे हें झाड. ताचें खोड गुळगुळीत, झाड पसरट आनी खोडाचो घेर सुमार १.५ मी. रुंद. खोडावयली साल गुळगुळीत आनी सालीवयर गाठी आसतात. पानां एकाआड एक, पिच्छाकृती, पर्णिका, ५ ते ७ तांतयां आकाराची आनी लांबगोल आसता. हे झाडाक फुलां फुलतात. ह्या फुलांचो रंग गुलाबी, जांभळो वा धवो आसता. हीं फुलां वांसाळ आनी खांद्याच्या तेंगशेर फुलतात.

ह्या झाडाक ४ ते ७ वर्सां उपरांत फळां येतात. हीं फळां मे-जून ते नोव्हेंबर-डिसेंबर ह्या काळांत येतात.

हें झाड कोंकणांत दोंगराळ भागांनी दिसतातूच, तेभायर हीं झाडां पोरसांनी सोबेखातीर लायिल्लीं दिसतात. ह्या झाडाक सारें लागना, पूण तांची फुलां सारें म्हणून वापरतात.

करंजाचे उपेग :

१) घरगुती २) वखदी ३) धार्मीक

१) घरगुती : करंजाच्या फुलांचेर गांजीलमूस खूप येतात, तेखातीर हे पिकांचे परागण बरें जाता. ह्या फुलांचें सारें बरें आशिल्ल्यान तांचो उपेग चडकरून कुंड्यांनी फुलझाडांक करतात. करंजलाच्या बियांपासून तेल काडटात ताका 'करंजेल' म्हणटात. तेल काडल्या उपरांत पेंड उरता. ही पेंड रूचीन कोडू लागता म्हूण ती गोरवांक खावपाक घालतात. ही पेंड खाल्ल्यान गोरवांचे दूद वाडटा. तशेंच ही पेंड खत म्हणून मोठ्या प्रमाणांत उपेग जाता.

हेखातीर ऊस, फळझाडां, कॉफी आनी भाज्यांच्या पिकांखातीर हें सारे उपेगाक पडटा.

करंजाच्या लाकडाचोय उपेग बरो तरेन करूं येता. करंजाचे लाकूड धवें आनी चकचकीत आसता. पोरने जातकूच तें हळडुवें जाता. हें लाकूड चड काळमेरेन तिगना आनी ह्या लाकडाची काळजी सारकी घेतलिना, तर त्या लाकडाक किडी पडटा आनी तें बरगेता. हें लाकूड कापपाक सोंपे, तशेंच ताचेर कोरीव काम करपाक, पॉलिश करपाक आर्दी. सारकिल्लीं कामां करप सोंपे जाता. जोत, बैलगाडो, बैलगाड्याची चाकां, तराफे, तेला-घाणो, फर्निचर करपाक ह्या लाकडाचो उपेग करतात. हाचें लाकूड जळव म्हणुनूय उपेग करतात. करंजाची तन्न्यो खांद्यो दांत घासपाखातीर उपेग करतात. ह्या लाकडाचो गोबर केंस रंगोवपाकूय उपेग करतात.

करंजाचो जसो घरगुती उपेग करपाक मेळटा तसोच ताचो वखदीय उपेग करपाक मेळटा. करंजाच्या बियांचो पिठो ज्वरनाशक आनी बृंहण. ताचो उपेग श्वासनलिकाशोथ तशेंच खोकलेचेर गुणाक पडटा. बियो चिड्डून ताचो गर महारोगांचे व्रण, काती रोग आनी संधिवाताचेर गुणाक पडटात. कातीचे रोग जशे खरोज, सरपीण आनी शिबांचेर ह्या करंजापसून गूण मेळूं येता.

२) वखदी : करंजेल, तिळेल, खोबरेल, भिकणां-तेल तशेंच पॅरॅफिनांत घोळोवन कातीचेर लावूं येता.

करंजीच्या सालीचो काडो बेरी बेरी ह्या रोगाचेर गुणाक पडटा. "गोडेमुताचो त्रास आसत तर सुकिल्ल्या फुलांचो काडो करून पिवचो. वात, आंग दुखप आनी सांधेसुजेचेर करंजाच्या पाल्याचो शेक मारून, करंजाचे तेल चोळल्यार जाता.

वयले वखदी उपेग करचे पयलीं योग्य दोतोराचो सल्लो घेवचो आनी करचो.

करंजिचो जसो घरगुती आनी वखदी संबंधात उपेग जाला तसोच धार्मीक संबंधांतूय ह्या झाडाचो उपेग जाला. करंज ह्या झाडाचो उल्लेख रामायण (अरण्य ७३, उत्तर ४), महाभारत (वन. २३०, अनु. १०७), भागवत ३.२१) आदी प्राचीन ग्रंथांनी मेळटा. अमरकोशांत बहाचें चिरिबिल्व, नक्तमाल (रक्तमाल), करज आनी करंजक अशे चार प्रकार सांगल्यात. ह्या झाडार क्षुद्र देवतेचो निवास आसता आनी पुत्रार्थी लोक हिका नमस्कार करतात, अशें महाभारतांत म्हणिल्लें आसा. (वन. २३०-३५-३६) तशेंच ह्या झाडापोंदा एक वर्सभर दिवो लायलो तर संतती प्राप्त जाता, अशेंय म्हळां. (अनु. १२७८) ह्या कारणाक लागून आदल्या काळांत करंजिचो सोद लावन करंजेल तयार केलें आसूं येता आनी तें तेल दिवो पेटोवपाक उपेगांत हाडलें आसूं येता. आज ह्या करंजेलाचो उपेग केल्लो दिसना. जशें उंडेल, खश्टेल, तिळेल, भिंडेल काळाभायरें जालां तशें करंजेलय काळाभायरें जाल्लें दिसता.

– सं. मं.

करंदीकर, विंदा (गोविंद विनायक करंदीकर) : (जल्म : २३ ऑगस्ट १९१८, कोंकणांत घालवली हांगा (उ), देवगड तालुको, सिंधुदुर्ग जिल्लो, महाराष्ट्र. मरण : १४ मार्च २०१० महाराष्ट्र)

मराठी कवी, समीक्षक, अनुवादक, बालगीतकार, लघुनिबंधकार. एम्. ए. (इंग्लीश) पदवी मेळल्या उपरांत रुइया आनी एस. आय. ई. एस. (शीव) मुंबय हांगाच्या महाविद्यालयांत ताणें इंग्लीश विशयाचो अध्यापक म्हूण काम केलें. १९७६ त ताणें निवृत्ती घेतली.



१९४९ त 'स्वेदगंगा' हो ताचो पयलो कवितासंग्रह उजवाडाक आयलो. उपरांत १९५४ त 'मृदूगंध', १९५९ त 'धृपद', १९६८ त 'जातक', आनी १९८१ त 'विरूपिका' हे कविता संग्रह उजवाडाक आयले.

१९६१ त 'राणीची बाग', १९६१ त 'एकदा काय झालं', १९६३ त 'सशाचे कान', १९६३ त 'ए टू लोकांचा देश', १९६५ त 'परी ग परी', हे ताचें बालसाहित्य उजवाडाक आयले. 'परंपरा आणि नवता' १९६७ त, १९५७ त 'ॲरिस्टॉटलचे काव्यशास्त्र' हे समीक्षात्मक लेख तर 'फाऊस्ट' भाग – १ आनी 'राजा लियर' हे ताचे अनुवाद आनी संपादनां. १९५८ त 'स्पर्शाची पालवी', १९६५ त 'आकाशाच्या अर्थ' हीं ताची हेर ललित निर्मिती.

इंग्लिशिंतली ऑडेन, स्पेंडर, इलियट हाचे संस्कार विंदाचेर आशिल्लें. इंग्लिशिंतली 'मॉडर्निसम' (आधुनिकतावाद) वळणाचोय प्रभाव ताचेर पडिल्लो.

विंदा हे तत्वज्ञाची प्रतिभा आशिल्लो कवी. अनुभवाचे विरूप सोदपाक ताका रस आशिल्लो. विरोधाभासात्मक रचना आनी कोंकणी विक्षिप्तपणां हाचें बरोबरूच ताणें वक्तृत्वपूर्ण, अलंकरणात्मक रचना केल्या. एकाच वेळा सामर्थ्य, कोमलता, विमुक्तपणा उपरोध, मिश्किलपण, विक्षिप्तपण आनी बौद्धीक कोडें घालपांतलें गांभिर्य आनी विचारात्मक सामर्थ्य आनी शक्यता हाचो उपेग करपी संपन्न प्रतिमासृष्टी हेंय ताचें वेगळे खाशेलेंपण आशिल्लें. 'विरुपिका' ह्या निमाण्या काव्यसंग्रहांत विरुपता म्हळ्यार कितें हें सांगतना ताणें म्हळां, 'एखादे भाविल्लो अणभव, विचार वा अवस्था विरुपाच्या आधारान काव्यरूप जाल्ली दिसली, की त्या कवितेक आपूण 'विरुपिका' म्हणटा. विरुपाचे अंश म्हज्या कवितेंत आदीं येताले हांगा ते अजापीत रितीन केंद्रीत जाल्यात. नवकाव्याची सुखातूच विरुपिकेपासून जाल्या अशें म्हणूं येता.' ताच्या बालगीतांतूय एक प्रकारची विक्षिप्तपणां आनी कल्पनेची भावना येता. बाल कविता म्हणून 'जाणीवपूर्वक' हो वाङ्मय प्रकार हाताळपी मराठींतलो पयलोच कवी अशेंय कांयजाण ताका योग्य स्त्रय दितात. पूण अद्भुतता, अभिव्यक्तितली तिरकसपणा, विनोद आनी मिश्किलपण हें ताच्या बालगीतांचे खाशेलपण.

ताणें वसंत बापट आनी मंगेश पाडगांवकार ह्या दोन सहकाऱ्याबरोबर रविकिरण मंडळान लोकप्रिय केल्ली काव्यगायनाची परंपरा नव्या प्रकारच्या काव्यवाचनान

महाराष्ट्रांतूच न्हय, तर महाराष्ट्राभायरय पावयल्या. तशेंच 'ज्ञानेश्वर ते मर्ढेकर' हो मराठी काव्यपरंपरेचो धागो स्पश्ट करपी कार्यक्रम करून रसिकांक मराठी कविपरंपरेंत खंड पडूंक ना अशें दाखोवन दिलें.

केंद्र शासनचें आनी एन. सी. ई. आर. टी. ची चार बक्षिसां, महाराष्ट्र शासनचे वेगवेगळ्या वाङ्मय प्रकारांत धा पुरस्कार, 'ललित' 'समीक्षक परितोषिक', 'सोव्हिएट लँड नेहरू पुरस्कार' १९७० त फावो जालो. १९८२ सालांत सीनियर फुलब्राईट पारितोषिक, १९८२ त कुमारन् आसत पुरस्कार, १९९१ त कुसुमाग्रज पुरस्कार, अखिल भारतीय कवितेखातीर दिल्लो कबीर सन्मान पुरस्कार फावो जालो. तर १९९३ त जनस्थान पुरस्कार, १९९४ त टिळक महाराष्ट्र विद्यापीठचो कोणार्क सन्मान, सनमान्य डी. लिट्‌ अशे साबार सन्मान मेळल्या. साहित्य अकादमी नवी दिल्लीचो महत्तर सदस्यत्व हो सगळ्यांत उंचेलो सन्मानय ताका १९९६ त लाभलो. १९६७-६८ त अमेरिकेंत शिकागो विद्यापिठांत संशोधन वृत्ती प्राप्त जाली तर १९७० त रशियेचो पुष्किन समारोहांतलो वांटेकार जाल्लेखातीर प्रवास जालो. कवितेच्यो पोरन्यो आवृत्यो नाकारून काव्य बरप थांबोवपी ह्या कवीन आपल्याक मेळिल्ल्या सन्मान बक्षिसांची रक्कम साहित्य संस्थांक वांटल्या. वि. स. खांडेकर (१९७४), कुसुमाग्रज (१९८७) हांचे उपरांत ज्ञानपीठ पुरस्कार फावो जाल्लो मराठींतलो हो तिसरो साहित्यकार आसा. 'अष्टदर्शने' ह्या ताच्या कविताझेल्याक २००३ वर्सा ३९ वो 'ज्ञानपीठ' पुरस्कार फावो जालो. आज आधुनीक मराठी कवीं मदलो तो एक प्रायोगीक कवी अशें मानतात.

– सं. मं.

कर्की (दैवज्ञ शांकर) मठ : दैवज्ञ ब्राह्मण समाजाचें शांकर गुरुपीठ आशिल्लो मठ. हो मठ कर्नाटकांतल्या कर्की गावांत आसून, ताची स्थापना १६ एप्रिल १९८६ दिसा जाली. ह्या गुरुपिठाचें, ज्ञानेश्वरी पीठ अशें नामकरण करून, पिठाधिशाचें नामकरण श्रीसच्चीदानंद ज्ञानेश्वर स्वामी अशें केलां. ह्य मठाचें अधीपत्य, विशेश करून, गोंय, महाराष्ट्र आनी कर्नाटकांत आसून, दैवज्ञ (शेट सोनार) समाजाचें हें स्वतंत्र गुरुपीठ आसा. ह्या पिठाचो पयलो अधीपती म्हणून कर्कीच्या रामचंद्र महाबळेश्वर भट्ट (रिवणकर) हाच्या रमेश नावाच्या चल्याची निवड जावंन, तो ह्या स्वतंत्र दैवज्ञ मठाचो पयलो स्वामी म्हणून मठाचो कारभार चलयता. ही मठपरंपरा शांकर मताची अद्वैती परंपरा आसा.

हो मठ मुंबय – मंगळुर राजमार्गार असून, कुमट्यासावन २० किलोमिटर आनी होन्नावर सावन एक किलोमिटर अंतराचेर आसा. कर्कीच्या श्री. रामचंद्र महाबळेश्वर भट्ट (रिवणकर) हाणे बांदिल्ल्या श्रीगणपतीच्या देवळालागीं, ताणेच दान केल्ले जमनींत, पुर्वाभिमुखी अशें भुवनेश्वरी तथा ज्ञानेश्वरीचें मंदीर आनी मठाची उभारणी केल्या.

दैवज्ञ ब्राह्मण हे आदीसावन शांकर मताचे अद्वैती अनुयाची आसले. उप्रांत तांचेमदले दक्षीण कर्नाटक ते केरळ मेरेनचे माध्वचार्याच्या वैष्णव अद्वैती मताचे अनुयायी जाले. उडुपी हांगच्या माध्वचार्य संप्रदायी अष्ठ मठांमदल्या 'सोदे' मठाचे अनुयाची जाले. ह्या मठांत दैवज्ञ ब्राह्मणांक खाशेलो तिर्थप्रसादाचो अग्रक्रमाचो मान आसलो. उप्रांत मठाचेर वर्चस्व आशिल्ल्या हेर ब्राह्मणांचे सांगणेवयल्यान हो मान मठान काडून घेतलो.

आपणालो गेल्लो मानाचो अधिकार परत

प्राप्त करपाचे नदरेन ह्या समाजान, समाज जागृतीचें काम हातांत घेतलें. तेप्रमाण १९९४ वर्सा कुमठा हांगा समाजाचें रामराव शिवप्पा वेणेकर हांचे अध्यक्षतेखाला अधिवेशन घेतले. फुडेंय अशच समाजाचे मेळावे घेवन दैवज्ञ ब्राह्मणांचें स्वतंत्र दैवज्ञ गुरुपीठ निर्माण करपाचो अखेरेक निर्णय जालो. हें गुरुपीठ बंगळुराक जावंचें असोय विचार १९८० त जालो. स्वतंत्र गुरुपीठ स्थापनेखातीर, पंचवीस वांगडी आशिल्ली 'दैवज्ञ गुरुपीठ संस्थापना समिती' १९८३ त घडयली.

श्री सच्चीदानंद ज्ञानेश्वर स्वामी
स्वतंत्र पिठाचो पयलो स्वामी

स्वतंत्र गुरुपीठ स्थापन करून थंय स्वतंत्र गुरु परंपरा निर्माण करपाच्या उद्देशान, कर्की हांगच्या, रामचंद्र महाबळेश्वर भट्ट (रिवणकर) हाचो पूत रमेश हाची स्वतंत्र मठाचो शिश्य म्हणून दिक्षा घेवपाखातीर निवड केली. शिश्य पदाचो फुडल्यो धार्मीक विधी करून घेवपाखातीर, दैवज्ञ संस्थापन समितीन सोदे मठाधिपती श्री विश्वोत्तम तीर्थ हाका विनंती केली. पूण दैवज्ञ बटु हो मठाच्या शिवल्ली ब्राह्मण जातींतलो नाशिल्ल्यान, आपूण ताका दिक्षा दिवक शकना अशें ताणें सांगलें.

२४ जून १९८४ दिसा बंगळुराक घेतिल्ले संस्थापन समितीचे बसकेंत, अखिल भारतीय माध्वसंप्रदाय म्हामंडळाचो अध्यक्ष आनी अष्टमठांमदल्या पेजावर मठाचो स्वामी श्री विश्वेशतीर्थ हाका दिक्षा दिवपाची विनंती केली. ताणे २ मे १९८५ दिसा दैवज्ञ बटु रमेश रामचंद्र भट्ट (रिवणकर) हाचे मुंजिचो विधी, उडुपीच्या श्रीकृष्ण मठांत केलो आनी स म्हयन्याउप्रांत आपूण ताका ब्रह्मोपदेश करून शिश्याची दिक्षा दितलों म्हणपाचें उतर दिलें.

पूण मध्यंतरी अष्टमठांच्या हेर मठाधिपतींक तशें अनुयायांक, पेजावर मठाधिपतिची ही कृती मानवलिना आनी ताणी पेजावर मठाधिपतीक अडचणींत हाडून, ताचेकडल्यान शिश्य दिक्षा विधी जावचीना हाची खबरदारी घेतली.

दैवज्ञ शिश्याक दिक्षा दिवपाचें कार्य हेर जातींतल्या मठाधिपतींकडून जावंचें ना हें समजल्या उप्रांत, दिक्षा-दान करपाचे काम दैवज्ञ गुरुकडसूनच करून घेवपाचो निर्णय जालो. तशेंच माध्वसंप्रदाय सोडून आदलो शांकर संप्रदायच स्विकरचो अशेंय थारलें. प्रस्तावीत मठाची सुवात बंगळूर सोडून कर्की हांगा जावची असोय निर्णय जालो. तेप्रमाण, हिमालयांत रावपी, दैवज्ञ स्वामी, प्रज्ञानंद हाचेकडेन संपर्क सादून, ताची संमती घेतली.

मध्यंतरी सोदे मठ – संरक्षण समितीन, दैवज्ञ स्वतंत्र गुरुपिठाक विरोध केलो. हे समितींत सोदे मठ अनुयायी आशिल्ले कांय दैवज्ञ ब्राह्मण आसले. ताणी हो स्वतंत्र मठ निर्माण जालो तर दैवज्ञ ब्राह्मणांमदीं फूट पडून, समाजाचें लुकसाण जातलें असो प्रचार सुरू कोले. माध्वचार्य मत सोडून शांकर मताची स्विकृती करता म्हणूनय आरोप जालो. विरोधकांनी ह्या मठाचे स्थापने आड मंगळुरच्या सिवील कोर्टांत खटलोय घालून दिक्षाविधीक तात्पुरती स्थगिती मेळयली.

हाचो परिणाम म्हणून स्वामी प्रज्ञानंद हाणें आपलें आंगू काडून घेतलें, आनी दिक्षा विधी जालोना.

फुडें दैवज्ञ गुरुपीठ संस्थापना समितीन हे स्थगिती आड अपील करून, स्थगिती काडून घेतली आनी उप्रांत विद्यारण्य विरुपाक्ष भुवनेश्वरी महापिठाचे अधिपती, नरशींव भारती स्वामी हाचेकडल्यान, रमेश रामचंद्र भट ह्या णव सर्वाच्या बटुक, शांकरसंप्रदायाची संन्यास शिक्षा ६ एप्रील १९८६ दिसा करून घेतली. ते वेळार कारवारच्या रामकृष्ण मठाचे स्वामीय उपस्थीत आसले.

– सं. मं.

करणी : एक अघोरी यातु विधी प्रकार. करणी हें उतर 'करप' वा 'करून घालप' ह्या धातुंतल्यान आयलां. करणी ह्या विधी प्रकाराक वायट करप वा वायट करून घालप, असो संदर्भ लागता. म्हणजे करणी करतलो मनीस दुसऱ्या मनशाचें वायट चिंतून, ताका पिडा-पीड जावंची ह्या उद्देशान ताचेर करणी करता. जादू-टोणो, काळी-जादू, होम-हवनां करून तशें पशुबळी दिवंन प्राप्त जाल्ले सिद्धी वरवीं आयल्या दुस्मानाक पिडा पीड दिवपाची करणेंत तांक आसता असो समज आसा. अशी करणी करून आपल्या दुस्मानाची भलायकी, उद्योग - धंदो, घर - दार, भुरगीं - बाळां, भाटां-बेसां हांचेर अपशरण हाडपाची करणी करतलो हें विधींत मागणी करता. करणेची विधी करपी काय खाशेले अघोरी मांत्रीक - तांत्रीक आसतात. ते मंत्र मारून कांय वस्तू करणी करतल्याकडेन दिता. ह्यो वस्तू जाचेर करणी करप जाल्या त्या मनशाच्या सहवासांत पावतकीर, तांचो ताचेर प्रभाव जाता. असो समज आसा. 'मूठ मारप' हो करणेचो एक आघोरी प्रकार. ह्या प्रकारावरीं दुस्मानाचो जीव घेवपाची लेगीत तांक आसता अशी धारणा आसा.

करणी हो एकाजादुचो (काळी) प्रकार समजता जाल्ल्यान, करणी करप जात कीर, जाचेर ती करप जाल्या ताचे संबंधी वा ताच्या घरा-दारांत चमत्कारीक अशो अमानवी घडणुको घडटात असो ताचेर विस्वास दवरतल्यांची भावनां आसा. अशो चमत्कारीक घडणुको घडल्याच्यो देखीय कांय जाण दितात. करणी हे विधी फाटल्यान, कसलो शास्त्रीय आधार नाशिल्ल्यान, ताच्या खरें - फटपणासंबंधी निश्चीत अशें सांगप शक्य ना. कांय लोक, विशेश करून, गांवगिऱ्या वाठारांतले लोक, करणी हे विधीक मानता आसले, तरी विज्ञानीक नदर राखपी लोकांखातीर तो एक कुड्डे स्त्रद्धेचो प्रकार आसा. अशें आसलें तरी आजय, सगळ्या धर्माच्या समाजामदीं हो प्रकार उण्या-भोव प्रमाणांत घाळणुकेंत उरला.

– सं. मं.

कर्णिक, मधु मंगेश : (जल्म : २८ एप्रील, १९३३, करूळ, कणकवली, जि. सिंधुदुर्ग)

कोंकणांतलो प्रसिद्ध मराठी साहित्यीक. ताणें पयली वीस वर्सां आपले मांयभुयेंत काडलीं. ताच्या ल्हानपणांतूच ताची आवय-बापूय भायर पडलीं. तांचेफाटल्यान ताच्या व्हडले भयणीन ताका वाडोवपाची जापसालकी घेतली. ताचें प्राथमिक शिक्षण करुळांत आनी माध्यमिक शिक्षण कणकवलींत जालें. शाळेंत आसतानाच ल्हान पिरायेचेर म्हळ्यारुच बारा वर्सां पिरायेचेर ताणें पयली कविता बरयली. मालवणच्या 'बालसन्मित्र'त ती

प्रसिद्ध जाली. १९५१ त ताची मॅट्रिक जाली. गरीब परिस्थिती आशिल्ल्यान ताका फुडलें शिक्षण घेवपाक मेळलें ना. एस. टी. च्या विजयदुर्ग भांडारांत ताणें कारकुनाची नोकरी केली. सुरवातीसावनच ताका ताणें साहित्यनिर्मितीची उर्बा आशिल्ली. ते खातीर ताणें कथालेखनाक प्रारंभ केलो. थंय ताची व्रतस्थ साहित्यीक श्रीपाद काळे हाचेकडेन वळख जाली. विजयदुर्ग हांगाच्यान उप्रांत तो कोल्हापुराक गेलो. संगीत आनी नाटक ह्या कलांचे निस्सीम उपासक गोविंदराव टेंबे हाचें चाळींत तो रावतालो. टेंबे हाचो सहवास ताच्या साहित्यनिर्मितिच्या नदरेन पोषाक थारलो. टेंब्यें हाणें ताका सतत प्रोत्साहन दिलें. तशेंच पु. ल. देशपांडे, गो. नी. दांडेकर, श्री. ना. पेंडसे ह्या नामनेच्या साहित्यिकांचो आशिर्वाद ताका सातत्यान लाभलो. तेखातीर ताणें साहित्यांत आत्मविश्वासान पदार्पण केलें आनी यश मेळयलें.



प्रा. गंगाधर गाडगीळ, अरविंद गोखले, पु. भा. भावे आनी व्यंकटेश माडगूळकर ह्या ताच्या पयलीच्या पिगळीच्या समर्थ कथा लेखकांनी मराठी कथा विश्वांत चैतन्य हाडलें. ह्या सगळ्या लेखकांनी ताका वास्तव जिणेकडेन पळोवपाची नदर दिली. लेखनाचे नवें भान दिलें. व्यंकटेश माडगुळकराची लेखनप्रकृती ही आपल्या लेखनप्रकृतीत लागीं आसा, अशें दिसतकच ताचो 'कोंकणी ग वस्ती' हो पयलो कथासंग्रह उजवाडाक आयलो. ताचें उपरांत ताचो 'तोरण' हो कथासंग्रह उजवाडाक आयलो. हाचेभायर ताचे हेर कथासंग्रह आसात. 'पारध', 'मंत्र', 'भुईचाफा', 'मांडव', 'गुंजा', 'संकेत', 'तहान', 'डोलकाठी', 'झुंबर', 'केवडा', 'गवळण', 'पुरुषसुक्त', 'चंद्रोदय', 'देवकीळ', 'काळे वज्रतळ', 'तांबडी माती', 'प्रतिमा', 'उत्तरायण', 'अनिकेत', 'गावाकडच्या गजाली', 'काळवीट', 'दखल', 'चटक चांदणी', 'कमळण', 'कळस', 'अभिषेक', 'लामणदिवा', 'मनस्विनी', 'स्पर्श उत्कटाचे', 'वेचक मधु मंगेश कर्णिक', 'समर्पण', 'स्वर अमृताचा', 'भोवरा पुण्याई', 'चिदार', 'कॅलिफोर्नियात कोकण'.

कर्णिक हाका निसर्गरम्य कोंकण खूब आवडटा. गोंय आनी मुंबय ही ताची कर्मभूंय. आज ताचें वास्तव्य जरी मुंबयत आसलें, तरी ताचो जीव रमता तो कोकणांतूच. कोंकणची भूंय ही ताच्या सृजनशीलतेची मर्मबंध.

मधु मंगेश कर्णिकाच्या वाङ्मयांत सर्जनशील प्रतिमेवांगडा ताची समाजमनस्कता प्रतिबिंबित जाल्या. रत्नागिरींत जाल्ल्या अखिल भारतीय मराठी साहित्य संमेलनाचे अध्यक्षपद ताका मेळळा. ताणें कविकुलश्री केशवसुताचे स्मारक उबें केले. तशेंच करूळ ह्या ताच्या जल्म गांवांत 'नाथ पै वन राई' उबारली. हेखातीर ताणें आपली अकरा एकर जमीन दिली. तशेंच माध्यमिक शाळा, कंवचेंचो कारखानो सुरू केलो. ताच्या प्रेरणेन 'कोंकण साहित्य परिषदेची स्थापना जाली.

मधु मंगेश कर्णिकाची हेर साहित्य संपदा अशी आसात. कादंबरी :– 'देवकी', 'सूर्यफूल', 'निरभ्र', 'माहीमची खाडी', 'भाकरी आनी फूल', 'जुईली',

'सनद', 'कातळ', 'वारूळ', ललित लेख संग्रह – 'सोबत', 'जिवाभावाचा गोवा', 'माझा गाव', 'माझा मुलुख', व्यक्तिचित्र संग्रह – 'लागेबांधे', 'अबिर गुलाल', 'त्यांनी लिहिलेली नाटके 'देवकी', 'केला तुका झाला माका', (मालवणी भाशेंत अप्रकाशीत) आसात. 'जगननाथ आणि कंपनी', 'शाळेबाहेरील सौंगडी', हे ताचे बालवाङ्मय. तर 'लघु उद्योग' हे तंत्रविशयक लेखन. 'मराठी जगत', 'Entreprencur Development' 'अमृत सारस्वत', हीं ताची संपादितां आसून 'दूत पर्जन्याचा' हें ताचें चरित्र आसा.

– सं. मं.

कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकादमी : कर्नाटक सरकारान कर्नाटकांतल्या कोंकणी लोकांचे मागणेवयल्यान, कोंकणी भाशेचो वावर करपाक सुरू केल्ली एक संस्था. ही संस्था मंगळूर शारांत २१ एप्रील १९९४ दिसा सुरू जाली आनी ती घडपाक तेन्नाचे कर्नाटकाचे मुखेलमंत्री, श्री विरप्पा मोयिली हांचो आदार मेळलो. ही संस्था हेर भाशांचे अकादमीसारखी सरकारी अनुदानाचेर चलता. सद्याक तिचें कार्यालय, मंगळुरांतल्या लालबाग वाठारांतल्या मंगळूर महानगरपालिकेच्या इमारतींत आसा.

कोंकणी भास, साहित्य, संगीत, नाटक, लोकवेद, शिक्षण आदी कोंकणी भाशेसंबंधी विशयांक प्रोत्साहन दिवन, वेगवेगळ्या कोंकणी मळांचेर मोलादीक वावर करपाक कोंकणी संस्थांक मार्गदर्शन, प्रोत्साहन आनी आर्थीक बळगें दिता आसतानाच, अकादमी कोंकणीच्या सगळ्यां मळांचेर आपल्यो खाशेल्यो कार्यावळ आयोजीत करता. साहित्य प्रकाशनाखातीर अनुदान, साहित्य – खरेदी, साहित्य – भास – नाटक – संगीत – लोकवेद संबंधी थळाव्या संस्थांच्या सहकार्यांत परिसंवाद, कार्यशाळा, प्रदर्शनां आयोजीत करता. हातूंत आतांमेरेन साहित्य कार्यशाळा (म्हैसूर), लोकवेद कार्यशाळा (मंगळूर, बंटवाळ), तुळु–कोंकणी– कन्नड त्रिभाशा कवी संमेलन (मंजेश्वर), कोंकणी कला उत्सव (बेंगळूर, सदाशीवगड, दिल्ली), कोंकणी प्रिप्रायमरी आनी हायस्कूल पाठ्यपुस्तकां – निर्मिती, कोंकणी बाल प्रतिभा – सर्त, बाल साहित्य संमेलन, वेगवेगळ्या मळांवयल्या मानेस्तांक पुरस्कार – गौरव – सन्मान आस्पाव जाता. तेभायर कोंकणी मळार मोलादीक योगदान दिल्ल्या म्हालगड्यांक अकादमीवतीन फेलोशिप दिता. अशी फेलोशीप मणिपालचे कोंकणी म्हालगडे श्री. के. के. पै हांकां फावो जाल्या.

अकादमीन आयजमेरेन कोंकणी संबंधीत विशयावयले कोंकणी, कन्नड आनी इंग्लीश भाशेंत पन्नासांवयर पुस्तकां प्रकाशीत केल्या. मानेस्तांची चरित्रां (लुईस मास्कारेन्यस, कार्नाड सदाशिव राव, पंडीत तारानाथ, हिरियक रामराय मल्या, डॉ. टी. ए. एम. पै, बिडार कृष्णप्पा), जिवीत आनी कार्य हे माळेंत १८ मानेस्तांची ल्हान ल्हान चरित्रां उजवाडाक हाडल्यात. हातूंत फा. सि. सि. ए. पै, बाकीबाब बोरकार, महाकवी गोवींद पै, आनी हेरांचो आस्पाव जाता. जानपद साहित्य प्रकारात 'कुडम्यालीं गुम्टां' आनी ''तोणयां पदां'' (सं. गोपाल गौडा), 'कुडिम जनपद संग्रह' (सं. डि. वि. प्रकाश), 'खार्वी लोक गीत संग्रह' (सं. सुरेश तांडेल), 'सिद्धी लोक – गीत संग्रह' (सं. फ्रान्सिस हानोडकर) हीं प्रकाशनां उजवाडाक हाडल्यात. तशेंच ''कोंकणी समांतर शब्दकोश'', 'इंग्लीश कोंकणी शब्दकोश' (सं. स्टीवन क्वाड्रस), कन्नड लिपयेंत कोंकणी बरोवची

प्रमाण रीत (फा. प्रताप नायक), कोंकणी कळो (पूर्व प्राथमीक भाशा विकास साहित्य) हे भाशा शास्त्रीय ग्रंथ उजवाडाक हाडल्यात. तेभायर 'विसाव्या शेकड्यांतली कोंकणी कविता' (सं. मेल्वीन रोड्रीगस), 'विसाव्या शेंकड्यांतली कोंकणी काणी' (सं. वल्ली क्वाड्रस), आर. एस. बी. साहित्य संग्रह (सं. पुंडलीक मराठे) कोंकणी महिला साहित्य (सं. कुसुमा पै) कोंकणी कादंबरी (यु. एस्. शेट), कोंकणी लोकवेद साहित्य (वेंकटेश मेस्ता) हे म्हत्वाचे साहित्य ग्रंथ प्रकाशीत केल्या. ''कोंकण्याली कावी कला'' (सं. कृष्णानंद कामत) हें पुरातन कावी चित्रकलेचेर आदारीत संशोधनात्मक पुस्तक प्रकाशीत केला. हांचेच जोडयेक 'कवितामृत', 'दिनकरालीं कवनां' (अनु. कुडल आनंद शानभाग), 'सुवर्ण कर्नाटकांत कोंकणी लोक' (सं. फा. रिचर्ड रेगो), 'साश्विलो उगडास' (ले. विक्टर डिसिल्वा) 'भायल्यान आयिल्ला वारे' (एरीन रिबेल्लो), 'संस्कार' (अनु. विन्सेंट आल्व), 'गोंय सोडून आयिल्ली मांय' (जोकीं पिरेरा), हींय पुस्तकां उजवाडाक हाडल्यात. तशेंच ''गीतामृत साकी'' (बंग्लो नारायण कामत - १९१८) चें पुनरमुद्रण करपाक केनरा असोसियेशनान अनुदान दिलां.

अकादमीचें अध्यक्षपद सांबाळिल्ले अध्यक्ष अशें आसात.

१) श्री. वि. जे. पि. साल्डान्हा (१९९४-९५)
२) श्री. बी. वि. बाळिगा (१९९९-९७)
३) श्री. बस्ती वामन शैणे (१९९७-२००१)
४) मोंस. अलेग्झेंडर एफ्. डिसोजा (२००१-०४)
५) श्री. एरीक ओझेरियो (२००४-२००८)
६) श्री. नारायण खार्वी (२००८ - :)

- डॉ. गिता शेणै

कर्नाळा पक्षी अभयारण्य : कोंकणांतल्या (महाराष्ट्र) पनवेल वाठारांतलें एक म्हत्त्वाचें अभयारण्य. हें अभयारण्य आकारान ल्हान (४.२७ चौरस किलोमिटर) आसलें तरी थंय खूप तरेचीं आनी व्हड संखेन सुकणीं आसता. मुंबय - गोंय म्हा मार्गा कुशीक आशिल्ल्या ह्या अभयारण्यांत सुमार १५० जातिचे स्थायीक आनी सुमार ४० जातिचे स्थलांतरीत पक्षी मेळल्यात. ह्या अभयारण्याची १९६८ त स्थापना केल्ली. ह्या अभयारण्यासभोवतणिचो दोंगराळ



तसो रानां-वनांचो वाठार ह्या अभयारण्याक एक खाशेली सैमीक सोबितकायेची फाटभूंय दिता. हीं रानां-वनां तरेतरेचे मोनजाताचो राबितो जाल्लो आसा.

हें अभयारण्य कर्नाळा ह्या इतिहासीक किल्ल्याच्या पायथ्याकडेन आसा. ४७५ मिटर उंचायेचो आनी तेराव्या शेकड्यांतले बांदावळीचो नमुनो आशिल्ल्या किल्ल्याक व्हड इतिहासीक म्हत्त्व आसा. मराठ तशें मुस्लीम, पुर्तुगीज आनी ब्रिटीश राजवटींत ह्या किल्ल्याचें योगदान व्हड आसा.

एका व्हड तळपार उबो आशिल्ल्या ह्या किल्ल्याच्या दरवाजांचेर हत्ती आनी वागाचीं चित्रां कांतयल्लीं आसा. थंय सैमीक रितीन निर्माण जाल्ले उदकाचे सांठेय आसात.

ह्या किल्ल्याच्या परिसरांत भवानी खडगेश्वर देविचें देवूळ देवळे हे सुवातेर आसा. ह्या देवळाभोंवतणी उदकाचीं तळीं आनी बुद्धकालीन धोली आसात. अंबरनाथ हांगा शीव मंदीर आसा आनी तें १०६० त शिलहारा राजा, मन्मु निरज हाणें बांदिलें अशें समजतात. वैष्णव आनी स्मार्थ अशा दोनय भाविकांचें तें देवस्थान आसा.

– सं. मं.

करबील (करीबेबु) : (मराठी : कढिलिंब, हिंदी : कटनिंब, गुजराती : कढिलिंबडो, संस्कृत : सुरभिनिंब, इंग्लीश : करी लीफ ट्री, कन्नड : करीबेवू, लॅटीन : मुराया कोनिजी.)

करबील हें एक पोरसांतलें झाड. कांय लोक कबिलाक 'करपील' अशेंय म्हणटात. ६ मी. मेरेन करबीलाचे झाड वाडटा. झाडाचें कांड बारीक आसलें, तरी तें घट आसता. ताचीं पानां संयुक्त रुपांत आसतात, तीं एकोडीं केन्नाच नासतात. कारबिलाच्या पानांक बरो वास येता. हीं पानां मात्शीं मिरमिरीत आनी तिखट आसतात. ताचीं पानां सुकल्यार लेगीत वास वचना. ताचीं फुलां एकोडीं नासतात, तांचे गोंडे जातात. फुलां बारीक आनी धवशा रंगाचीं आसतात. हाका बारीक फळां आसतात तांचें घोंस जातात. हीं फळां पिकल्या उपरांत जांभळ्या रंगाचीं जातात. तातूंत भितर एक वा दोन बियो आसतात. करबिलाच्यो खास अशो जाती नात.

करबिलाक खास तरेची जमीन जाय अशें ना. ताका सारें वा उदकूय घालिनात. रेब्यांत वा खातोडांत तो व्हड जाता. सावळेंतूय तो जियेता. मात जे जाग्यार वत कमी आनी झाडां चड आसतात, ते सुवातेर

तो ऊंच वाडटा. करबिलाची लागवड बियांपसून करपाक जाता, पूण अशीं झाडां बरीं वाडनात. बरे लागवडिखातीर पाळांक जे कोंब येतात, ते काडून रोयतात. ४५x४५x४५ सें. मी. लांब, रूंद आनी खोल आकाराचीं फोंडकुलां खणून ३x३ मी. अंतराचेर जून म्हयन्यांत पावसाक सुखात जातकच हे कोंब काडून रोवपाचे आसतात.

करबिलाच्या पानांचो वापर तांच्या सुरबूस वासाखातीर खाणाच्या जिनसांनी करता. चण्या रोस, मुगांगांठी, शितावयलो दाळचो रोस, बटाट फोव, चिवडो आनी हेर खाणांनी करबिलाची पानां वापरतात. चडशा पातळ खाणांनी सांसवांच्या फोण्णांत करबिलाचीं पानां तळसून घालतात.

– सं. मं.

करम : पळयात : आंबाड्या करम, तवशां करम

करमल : (मराठी – करंबळ, हिंदी – चलता, कन्नड – कंगला, संस्कृत – भव्य, इंग्लीश – एलेफंट ॲपल, लॅटिन – डायलेनिया इंडिका)

वर्सभर जगपी वखदी वनस्पत. करमलाच्या झाडाच्यो दरदोन जाती आसात १) रानवटी करमल आनी २) कुळागरी करमल.

रानवटी करमल : रानवटी करमलाची उंचाय ९-१२ मी. आनी ताच्या घेराची रुंदाय १-१.५ मी. आसता. ह्या झाडाच्या खांद्येच्या तोकाक पानां येतात. हीं पानां व्हड लांबशी झाडांची पानां सागवानाच्या पानांभशेन लांब आसता. तीं चिवट आनी दांतेरी आसता. पानांचो पोत तोंकाद, वयल्यान गुळगुळीत आनी पोंदच्यान मोव आसता.



करमलाची फुलां वासाळ आनी रंगान धवीं आसता. तीं सादारण मे-ऑगस्ट म्हयन्यांत फुलतात. हाका फळांय जातात. हीं फळां म्हळ्यारूच रानवटी करमलां. हीं करमलां आकारान गोल आसतात. हाची साल दाट पूण भितरलो गर मांसाळ आसता. ह्या फळांभितर एकापरस चड चेपटी बियो आसतात. हीं फळां खातासतना आंबट - गोड लागता. हें फळ तन्नें तशेंच तें पिकल्या उपरांत मीठ-साखर लावन खातकच आनिकय रूचीक लागता. हे झाडाच्या खोडावयली साल तांबडी आनी गुळगुळीत आशिल्ल्यान ताचे खवळे पडटात. रानवटी करमलाचे झाड चडकरून रानांतल्यांन व्हांवपी न्हंयच्या देगेर आसता.

रानवटी करमलाचे झाडापसून मेळपी लाकडाचो उपेग जाता तसोच ताच्या पानांचो आनी सालिंचो वखदी उपेग जाता. हे झाडाचे लाकूड रंगान तांबशे आसता. ताका दाटसाण आशिल्ल्यान ताचें लाकूड घटमूट आसता आनी ताका उदक लेगीत लागल्यार तें फुगना. घर उबारपावेळार वापराक लागपीं लाकडां, व्हडीं करपाक, हत्यारांचें दांडे, लाकडी आलमारी तशेंच लाकडी सजावटिचे सामान आदी ह्या लाकडापसून करतात. तेभायर हत्तींच्या दातांक आनी गाय, म्हस, हरण वा हेर खंयच्याय जनावरांच्या शिंगांक चकचकसाण हाडपाक ह्या झाडाच्या पानांचो उपेग करतात. जेवपाक पत्रावळ म्हणून ह्या पानांपसून तयार केल्ली पत्रावळिंचो उपेग करतात. गोरवां आनी हेर रानवटी जनवरां हीं पानां खातात. हे करमलाचो रोस काडून तातूंत साखर आनी उदक घालून थंय पेय तयार करतात. आनी तें खोकलीचेरूय गुणाक पडटा. पांय वळत जाल्यार हे झाडाच्या सालिचो रोस काडून तातूंत काळी मिरी बारीक वांटून पांयाक लेप लायतात आनी ताचेर पान दवरून कपड्यान घुटलायतात. वखदी उपेग करचे पयलीं दोतोराचो सल्लो घेवचो.

२) कुळागरी करमल : (हिंदी - अग्गाई, इंग्लीश - डायलेनिया, लॅटीन - डायलेनिया, लॅटीन - डायलेनिया पेंटागायना)

रानवटी करमळाच्याच वंशांतली ही एक दुसरी

जात. रानवटी करमल आनी कुळागरी करमल हांची लक्षणां चडशीं सारकींच आसा. हाचें खोड रानवटी करमलापरस घेराक चड रुंदाय आसता. तशेंच हाची पानां तीन पटिनी व्हड आसता. हाकाय फुलां फुलतात. हीं फुलां हळडुव्या रंगाची आसता आनी तीं सु. २.५ सेंमी. लांबायेची आसता. हीं फुलां मार्च-एप्रील म्हयन्यांत फुलतात. हाकाय करमलां हीं फळां जातात. तीं हळडुव्या रंगाची आसता तांची लांबाय १० सेंमी आसता. तीं मांसाळ आनी खावपासरकीं आसता. ह्या झाडाचे लाकूड सर्वसाधारणपणान रानवटी करमलाच्या लाकडाप्रमाणूच आसता आनी उपयोगय तसोच करतात. हाचे सालिपसून दोर तयार करतात. हाचीय पानां पत्रावळीं करपाक आनी खंयच्याय जनावरांची शिंगांक चकचकसाण हाडपाक ह्यां पानांचो उपेग करतात. कोवळीं फुलां आनी कळे तन्नीं वा शिजोवन खातात. हीं फळां जनावरांय खातात. हाका जावपी पानांचे सारेंय तयार करतात. ह्या फळांचो म्हळ्यारूच करमलांचो रोस काडून फुगांव / हुरहुरें आयल्यार घेतात. करमलांचें लोणचें वा मुरांबे करतात. करमलाची पानां कांय देवळांनी प्रसाद (कौल) लावपाक वापरतात तर चवथीक माटोळेंक हेर फळां आनी भाज्यां वांगडा करमलूय लायतात.

– सं. मं.

करमली, नागेश रामदास : (जल्म : ५ फेब्रुवारी १९३३, काकोडें – केपें)

गोंयचो सुटके झुजारी आनी नामनेचो कवी. बापायचें नांव रामदास माधव नायक करमली. ताणें मुळावें शिक्षण मराठी आनी पोर्तुगेज भाशेंतल्यान घेतलें. सुर्वेक तो खण उद्योगांत नोकरी करतालो.

उपरांत १९६२ वर्सा ताणें कामगार चळवळींत वांटो घेतलो. १९६६ वर्सा सावन आकाशवाणीच्या पणजी केंद्राचेर 'स्टाफ आर्टिस्ट' म्हूण नोकरी केली आनी थंयच्यान १९९१ त निवृत्त जालो.

तांकां भुरगेपणांतूच शिकता आसतना साहित्याची गोडी लागली. शाळेंतले शिक्षक, कविवर्य बाकीबाब बोरकार हाचें मार्गदर्शन तांकां मेळ्ळें. तेचपरी शणै गोंयबाबाची वरपावळ वाचून तांकां कोंकणी शक्तिचो दिश्टावो जालो. १९५२ वर्सा कोंकणीच्या वावराकडेन तांचो संबंद आयलो. तातुंतल्यानूच फुडें ताणें गोंयचे सुटके चळवळींत वांटो घेतलो. 'राष्ट्रीय काँग्रेस – गोंय' हे संघटनेवरवीं दक्षीण गोंयांत सुटके चळवळीचो प्रचार करपांत ताचो म्हत्वाचो वांटो आसा. सुटके झुजारी ॲन्थनी उर्फ टोनी द सोउझ हाच्या मार्गदर्शनाखाला ताणें १९५२ वर्सासांवन लोकांच्या मनांत पोर्तुगेज राजवटीआड जाग हाडपाक जायतो वावर केलो. १६ सप्टेंबर १९५४ दिसा गोंयांत 'तेरेखोल दीस' मनोवपाचें थारायल्लें, ह्या निमतान १५ सप्टेंबर दिसा रिवण ह्या वाठारांत भूंयगत वावर करता आसतना पोलिसांनी ताका धरलो. लश्करी कोर्टान ताका धा वर्सां खर बंदखणिची ख्यास्त

फर्मायली. तेभायर १५ वर्सां खातीर तांचें राजकी हक्क काडून घेतले. तो रेइश मागुश बंदखणींत आसतना, थंय बंदखणिंतल्या स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांचें कोंकणी अभ्यास मंडळ घडोवन 'जोत' नांवाचे हाताळें चलयलें. बंदखणींत ताणें चार वर्सां आठ म्हयने आनी दोन दीस ख्यास्त भोगतकच १७ मे १९५९ दिसा ख्यास्त सोंपचे आदींच ताची आग्वादचे बंदखणिंतल्यान सुटका जाली. उपरांत गोंय सुटकेमेरेन ताणें वेगवेगळ्या रूपांत वावर केला.

ताणें फाटल्या पंचवीस – सव्वीस वर्सांत कोंकणीचे उदरगतिखातीर बरोवपी, वावुरपी आनी संघटक म्हूण वावर केला. कोंकणी भाशा मंडळाचो तो एक संस्थापक वांगडी आसा. गोंयांतल्या 'लळितक' ह्या साहित्य दर्शनाचे कार्यावळिचो तो प्रवर्तक आसा. ताका कोंकणी भाशेवांगडाच, मराठी, हिंदी, इंग्लीश आनी पोर्तुगेज ह्यो भासो येतात. उर्दू, बंगाली आनी कन्नड भासांचो ताणें अभ्यास केला. कोंकणी पाठ्यपुस्तकां तयार करपाच्यो गोंय राज्य शिक्षण संस्थेच्या वावरांत ताणें वांटो घेतला. गोंय सरकाराच्या गॅझेटियर संपादक मंडळाचो तो वांगडी आसा. गोंयच्या स्वातंत्र्य सैनीक चरित्रकोशाच्या संपादन वावरांत ताचो वांटो आजुनूय आसा.

ताणें कोंकणी आनी मराठी भासांतल्यान वेगवेगळ्या तरांचें बरोवप केलां. तातूंत काव्य हो प्रकार मुखेलपणान केळयला. आकाशवाणीखातीर तरेकवार बरपावळ रचल्या. ताचें 'जोरगत' (१९७९) 'सांवार' (१९७९), 'वंशकुळाचें देणे' (१९८९), 'थांग अथांग (२००७) अशे कवितां झेले उजवाडाक आयल्यात. ताणें आद्य रंगाचार्य हाच्या 'केळु जनमेजया' (जनमेजया आयक) नाटकाचो आनी मोहन राकेश हांच्या 'आधेअधुरे' ह्या नाटकाचो अणकार केला.

कविता संग्रहाक १९९२ वर्साचो ताच्या वंशकुळाचें देणें ह्या साहित्य अकादमीचो पुरस्कार फाव जाला. १९७२ वर्सा भारतीय स्वातंत्र्याच्या रुप्या उत्सवी वर्सा निमतान भारत सरकारकडल्यान ताका ताम्रपत्र दिवन ताचो भौमान जालो. ताच्या 'जोरगत' ह्या कविताझेल्याक कोंकणी भाशा मंडळ आनी गोंय कला अकादमीचे राज्य साहित्य पुरस्कार मेळ्ळ्यात. १९८३ वर्सा कुडचडे हांगा जाल्ल्या अखिल भारतीय कोंकणी लेखक संमेलनाचो तो येवकार अध्यक्ष आशिल्लो. १९९६ वर्सा, कोची (केरळ) हांगा जाल्ल्या अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलनाचो तो अध्यक्ष आसलो. गोंय स्वातंत्र्य सैनीक संघटनाचो तो अध्यक्ष झाला. तशेंच ताका कुडचडे, कोंकणी कला साहित्य केंद्राचा जनगंगा पुरस्कार (२००९), राज्य साहित्यीक पुरस्कार (२००७), भारताच्या राष्ट्रपतीकडल्यान स्वातंत्र्य सैनीक म्हणून सन्मान (२००८) आनी गोवा कोंकणी अकादमीचो साहित्य प्रतिभा पुरस्कार (२००९) फाव जाला.

– सं. मं.

करमळकार, आत्माराम (आपा) नरसिंह :

करमळकार, आत्माराम (आपा) नरसिंह : (जल्म : २५ जून १९१६, पणजी)

गोंयचे सुटके झुजारी. ताणें लिसेवमेरेन (पोर्तुगीज शिकप) शिक्षण घेतलें. १९३४ वर्सा भारतीय राष्ट्रीय काँग्रेस (Indian National Congress) हें संघटनेचो तो वांगडी जालो. 'छोडो भारत' चळवळींतल्यान (Quit India) भूंयगत वावुरप्यांकडेन ताणें गुपीत तरेन संबंद दवरिल्लो. १९४५ वर्सा ताणें लिपचोरयां पत्रकां छापून आनी

तीं लोकांक वांटून तांचे वरवीं पोर्तुगेज गोव्हेर्नादोर जेराल, जुजे काब्राल हाच्यो गुपीत कारवायो आनी भ्रष्टाचार उक्ताडार हाडपाचो यत्न केलो. १९४८ वर्सा मुंबयसांवन येता आसतना पोलिसांनी ताका रातचो कुळें वाठारांत धरलो. ताणें ताचेकडेन आशिल्लो दादरा नगर हवेलीचो नकासो जप्त केलो. तेभायर ह्या नकाशाविशीं जायते प्रस्न केले आनी ताणें भारतीय वकिलातीकडेन संबंद दवरचो न्हय, असो आदेश दिवन ताका सोडलो. तो पणजे बँकेंत नोकरी करतासतना १९५० त पंडित नेहरून दिल्लीच्या लाल किल्ल्यावेल्यान पोर्तुगेज राजवटी आड टिका केल्ली. ताचे आड निशेद करपाखातीर पोर्तुगेज सराकारन एक पत्रक काडिल्लें. ह्या पत्रकाचेर सय करूंक ताणें न्हयकार दिलो. तेखातीर सां तोमे (St. Tome) वेले बँकेचे शाखेंत ताची बदली केलीं. सां तो मे हांगा वतासतना वाटेर, मुंबय पावतकच बरो नाशिल्ल्याचें सवंग करून ताणें तिकेट रद्द करूंक लायली आनी उपरांत निशेद परगटावपाक म्हूण बँकेक सोडचीट दिली. उपरांत तो मुंबय युनायटेड कमर्शियल बँकेंत काम करूंक लागलो आनी वांगडाच राष्ट्रवादी वावरांत वांटो घेवंक लागलो. महाराष्ट्र सरकार, गोंयांत आशिल्ली भारतांतली वकिलात (Consulate) आनी दिल्ली आशिल्लें विदेशी मंत्रालय (External Affairs Ministry) हांकां जोडपी म्हत्वाचो दुवो कसो तो वावुरलो. नॅशनल काँग्रेस गोंय संघटनेचो तो वांगडी आसलो. सुटके झुजारी पीटर आल्वारीस हाच्या पालवान तो वावुरप्यांक घातपाती आनी भूंयगत वावर करपाक तयार करतालो. २७ मार्च १९५४ दिसा १२० सत्याग्रहींक घेवन, गोंयांतली रेल्वे येरादारी बंद करची अशी मागणी करूंक ताणें कॅसलरॉक हांगा मोर्चा व्हेलो. १९५४ वर्सा ताणें दादरा नगर हवेलीचे सुटके चळवळीखातीर वावुरपी धाडिल्ले. आझाद गोमंतक दल संघटनेच्या पालवान नगरहवेलीची सुटका करपांक ताचो वांटो आसा. दादरा आनी नगर हवेलीचो प्रशासक म्हूण ताका एकमतान वेंचून काडलो. फुडें ताणें कश्टकरी आदिवासींक आदार दिवपाखातीर पंचायत राज्य आनी भूंय कायदो काडलो आनी प्रांताच्या प्रशासनांत लोकशाय राज्यपद्धत सहजतायेन हाडपाखातीर मोलादीक वावर केलो. तो गोंयच्या आनी गोंयांभायल्या कांय सुटके झुजाऱ्यांक अर्थीक पालव दितालो. गोंय सुटके मेरेन ताणें मुंबय रावन सुटके झुजाचो वावर केलो.

गोंय सुटके उपरांत तो जायतीं वर्सां भारतीय राष्ट्रीय काँग्रेस संघटनेचो, तसो सुटके झुजारी संस्थेचो पदाधिकारी आनी चिटणीस आशिल्लो. १९७२ वर्सा भारत सरकारान ताका ताम्रपत्र दिवन, मुंबय प्रदेश काँग्रेसीन पदक दिवन आनी दादरा आनी नगर हवेलीच्या प्रशासकान ताका मानपत्र दिवन ताचो भोवमान केला.

– सं. मं.

करमळी तळें : गोंयांतलें एक तळें. ह्या तळ्यार संसारभरचीं सुकणीं हवा – पाळटाखातीर येता – वता. थारावीक मोसमांत पक्षी निरिक्षणाखातीर पक्षी प्रेमी तशें पक्षी – अभ्यासक हांगा येवन पक्षांची माहिती घेता. हांगा स्थायीक तशें पर्यटक पक्षी पळोवंक मेळटा.

मुळांत, तळ्याच्या कुशीक आशिल्ले शेतवडीक उदकापुरवण करपाखातीर आदल्या काळांतल्या

शेतकाऱ्यांनी, बांद घालून, उदका आडवण करून, उदक सांठोवन दवरपाचे वेवस्थेंतल्यान ह्या तळ्याची निर्मिती जाली जावंये. आजय ह्या उदकाचे वापर ह्या शेतांक उदका पुरवण करपाक जाता. तळ्यांतली वनस्पत, तशें आशिकुशिच्या सैमीक संपदेक लागून हें तळें संसारभरच्या सुकण्यांचें आकर्शण जालां. हांगा सुमार ८० जातीचीं ५०० सुकणीं भेट दिता. पावसाळ्यांत हो आंकडो दोन हजारांवयर वता.

हें तळें तिसवाडी तालुक्यांतल्या (उत्तर गोंय) करमळी गांवांत आसून तें गोंयची राजधानी पणजी सावन बारा किलोमिटराच्या अंतराचेर आनी ऑल्ड गोवा ह्या संसारीक नामनेच्या धार्मीक तशें पर्यटक थळापासून तीन किलोमिटराच्या अंतरार आसा. ह्या तळ्याचो विस्तार सुमार सत्तर हेक्टर आसा.

करमळी तळ्याचो विकास करंजी सैम पार्क आनी वेदांतगल पक्षी अभयारण्य हांचे धर्तीर करपाचो विचार चालू आसा. पूण फाटल्या धा वर्सांच्या काळांत, ह्या तळ्याक तेंकून उबें जाल्लें कोंकण रेल्वेचें रेल्वे स्टेशन, तशी रेल्वे लायन आनी तळ्याक तेंकून उब्यो जावपी खाजगी जमनिंतल्यो इमारती, हांकां लागून तळ्याच्या परिसरांतल्या सैमीक वैभवाक बाधा येवंक लागल्या आनी तळ्याच्या परिसरांतले वातावरणांत व्यत्यय येवंक लागला. हाचो परिणाम थंय येवपी सुकण्यांचे उपस्थितीचेर जावंक लागला. तशेंच आशिकुशिच्या राबित्यांतल्यान घाण उदक ह्या तळ्यांत पाजरपाक लागिल्ल्यान, तळ्याचें उदक दुशीत जावंक लागलां.

तशेंच तळ्यांत चिखलाची भर पडत राविल्ल्यान, तळ्यांतल्या जिवांचेर ताचो परिणाम जावंक लागला. हाचो वायट परिणाम थंय रावपी आनी भायरसून येवपी सुकण्यांचेर जावंक लागला असो जाणकारांचो अभ्यास आसा.

– सं. मं.

करवली : लग्नसुवाळ्यांत न्हवऱ्याचे भयणीक करवली अशें म्हणटात. 'करो' म्हळ्यार मंगल कलश. हो कलश म्हणजे माती वा धातुचो गाडगो. तातूंत मंतरायल्लें उदक भरता. ताच्या तोंडार आंब्या–

ताळो आनी ताचे वयर सोलिल्लो नाल, सोंडी वयर करून दवरता. हो कलश हातांत धरता ती करवली. म्हुर्ता वेळार न्हवऱ्याच्या फाटल्यान करवली करो घेवंन उबी रावता. कांयकडेन मंगल कलश माथ्यार घेवन करवली न्हवऱ्या फाटल्यान घोड्यार बसता. लग्नांत न्हवऱ्याचे आवय फाटोफाट करवलेक मान आसता. व्हंकलेची आवय करवलेचे पांय धुवन तिची होंट भरून तिचो भोवमान करता.

नुस्त्याच्या लग्नासंबंधींत कोंकणींत करवलीविशीं एक लोक गीत आसा तें अशें :

शेतूक (एक नुस्तें) करवली, भायर सरवली, खरचांडी (एक नुस्तें) रागान गेली रे पालवा (एक नुस्तें)

पुरक नोंद : कलश

– सं. मं.

करवल्यांचो उत्सव : गोंयच्या शिगमोत्सवांतलो एक उत्सव. ह्या उत्सवांत चलयांक बायलांचो भेस करून, आनी माथेंभर फुलां माळून, जाण्ट्यां दादल्यांच्या खांदार बसयतात, आनी गांवभर तांची मिरवणूक काडटात. मिरवणुकेवांगडा धोल – ताशांचें वाजप आसता.

ह्या चलयांक करवल्यो म्हणटात आनी गांवांतल्या घरांघरांनी, घरांतल्यो बायलो तांची पुजा करता. ह्या वेळार करवल्यो तशें हेर लोक अभंग गायतात. उप्रांत ह्यो करवल्यो गांवांतल्या देवळांत येतात. थंय गांवकरी देवामुखार गांवच्या आनी गांवकारांच्या संरक्षणाची, शांतीकायेची आनी कल्याणाची सामुदायीक प्रार्थना करतात. तीर्थ–प्रसाद घेतात आनी उत्सवाची सांगता करतात. हो उत्सव मुखेलपणान सत्तरी, दिवचल, दोडामार्ग ह्या गोंयच्या वाठारांनी तशेंच आई,

मांते, वझरी ह्या गोंय – महाराष्ट्र शिमे वाठारांत व्हड दबाज्यान मनयता. एका काळार अस्तित्वांत आशिल्ल्या 'सती' (घोवाच्या सरणार देह–दहन करपी बायल) हे संकल्पनेचें प्रतीक म्हणून हो उत्सव मनोवप जाता, अशें जाणकारांचें मत आसा.

– सं. मं.

करिकानम्मा देवस्थान : होन्नावर (कर्नाटक) लागींचें करिकानम्मा देवीचें देवूळ. होन्नावरा सांवन आठ किलोमिटराचेर पूर्व दिशेक अरे. अंगडि गांवासांवन एक घांट – रस्तो सह्याद्री पर्वतांच्या शिखराकडेन पावता. थंय हें देवूळ आसा. दर्या थरावयर सुमार १५००–२००० मिटर उंचोयेचेर सैमीक सोबितकायेन नटिल्ल्या वाठारांत आशिल्ल्या ह्या देवळाचो परिसर आकर्शक दिसता.

करिकानम्मा देवीसंबंधीं आख्यायिका अशी आसा. होन्नावरांत आशिल्ले शरावती न्हंय सांवन धा किलोमिटराचेर 'बसवराज दुर्ग' नांवाचो किल्लो आसलो. म्लेंछ लोकांचे पिडापिडेपासून संरक्षण

मेळच्या उद्देशान, करावलीचो शासक 'अरिकेसरी बसवराज' ह्या राजान ह्या किल्ल्यांत हे देवीची स्थापना केल्ली. ताच्या फाटल्यान ताच्या वंशजाचो म्लेच्छाकडल्यान नाश जाल्ल्या उप्रांत ही देवी सह्याद्री पर्वतार स्थलांतर जाली. थंय 'मल्लासूर' आनी 'भंडासूर' नांवान राक्षसाच्या रुपांत आशिल्ल्या दोन शाप ग्रस्त यक्षांचो नाश देवीन केलो. जंय मल्लासुराक आनी भंडासुराक मारलो ते सुवातेक मल्लारमक्की आनी भंडारमक्की अशी नांवां पडलीं. फुडाराक ही देवी शिळे रूपांत पर्वताच्या वदडिके (वृंदारक क्षेत्र) हांगा गुप्त जाली. फुडें थंयच्या लागिच्या गांवांतल्या 'गुब्बि' आडनांव आशिल्ल्या एका कुटुंबाची गाय दर दिसा येवन हे शिळेर आपल्या दुदाचो अभिशेक करूंक लागली. तिच्या धनयान तिका आडवपाचो यत्न केलो तरी धावून येवन ती पर्थून दुदा अभिशेक करूंक लागली. तेवेळर अश्टभुजा देवी प्रकट जाली आनी गायन केल्ले दुदा अभिशेक आपणेन स्विकारला आनी हांगाच म्हजो राबितो करपाक म्हाका निवास बांदचो, अशें सांगून अंतर्धान जाली. हांगच्या दाट आनी काळसर पाचव्या रानांत तिचें स्थान जालें. म्हणून तिका 'करिकानम्मा' अशें नांव पडलें.

हें क्षेत्र एक जागृत पवित्र क्षेत्र आसा. यात्रीक तसो आध्यात्मीक लोक हांगा येवन अध्यात्मीक आनी धार्मीक साधना करतात. १९५५ त श्री दत्तात्रयाले परमभक्त श्रीधर स्वामी हाणें ह्या देवळांत येवन तप केलें. ताणें ह्या देवळाचो जिर्णोद्धार करून नवें भवन निर्माण करूंक प्रेरणा दिली.

– अरूण उभयकार

करिबेबू : पळयात : करबील

करे : पावस आनी दंव जसो कुपांतल्यान पडटा तेचप्रमाण बर्फासारकें घट्ट उदकाचे कुडके केन्ना केन्ना कुपांतल्यान देंवता ह्या कुडक्यांत करे म्हणटात आनी तांच्या पडपाक 'कऱ्यां पावस' म्हणटात.

कऱ्याक, उपल, वर्षोपल अशीं संस्कृतांत नांवां आसात. करें गोल, चौकोनी वा वाकड्या तिकड्या आकाराचे आसतात. तांचो आकार ३–४ मि. मी. पासून संत्र्याच्या आकारा येदो आसता. सामके ल्हव ते १ किलो मेरेन वजनाचे आसता. ते बर्फाच्या एकार एक बशिल्ल्या थरापसून तयार जातात. धर्तरेवेल्या उदकाची वतान वाफ जावन मळबांत वतगीर थंयच्या थंडेंत जशे पावसाचे उदकाचे थेंब जातात आनी त्यापासून कुपां तयार जातात अशेंच प्रकियेंतल्यान पावसा थेंब्यांचें कऱ्यांत रूपांतर जाता.

सादारणपणान मध्यम अक्षांशाच्या खंडा अंतर्गत प्रदेशांत गिमांत करे पडटात. उत्तर आनी मध्य भारतांत नैऋत्य मन्सून येवचे पयली करे पडटात. उत्तरेक हिमालयालागीं करें पडपाचे प्रमाण चड आसता तर दक्षिणेकडेन तांचें प्रमाण उणें आसता. कोंकणांत नैऋत्य मन्सूनचें वारें सुरू जावचें पयली केन्ना तरी करे पडटात. हांगा दरवर्सा करें पडटात अशें ना. करे पडून घरांक, झाडांक, मोनजातींक आनी मनशांकय दुखापत जाल्ल्याच्यो देखी आसात. कांय वेळां कऱ्यांचो उपद्रव विमान प्रवासाकय जाता.

– सं. मं.

करो १ (खाण) : कर्नाटकांत, करावळी प्रदेशांतलें एक लोकप्रिय खाण. सांजेच्या च्या, कॉफी वेळार वांगडा खावपाखातीर करो

करतात.

अर्धकील चण्यां-पीठ, दोन कुलेरां (चमचे) पिठीमीठ, एक कुलेर मिरसांग्यां पिठो, दोन कुलेरां सोडा-पिठो, एक कुलेर मिरयां, एक कुलेर जिरें, तीन कुलेरां वोंवो, रूची पुरतो हींग आनी तळूंक तेल. हे करो करपाक लागपी जिन्नस.

जिरें मिरयां आनी वोंवो एकठांय कांडून पिठो करचो. हो पिठो, मीठ, मिरसांगा पिठो, सोडा - पिठो, हिंगा उदक आनी चण्यांपिठो एकठांय भरसून, अर्द कप उदकांत कालवचो. उप्रांत कायलींत तळपाचें तेल सळसळून तातूंत ह्या मिश्रणाचे ल्हान ल्हान गुळे तळून काडचे. तळून काडिल्ले हुनहुनीत अशे कुरकुरीत करे खावपाक रूचीक लागता.

– डॉ. गीता शणै

करो २ (लग्नांतलो) : पळयात : करवली

कल्लें : उदक शिंपपाचें लांकडी उपकरण. हें उपकरण चडशें कुळागारांतली रुखावळ शिंपपाखातीर वापरता. कुळागाराच्या वयलेवटेन, दोंगराच्या देंगणांतल्याने उदकाचो पाट (झर) व्हांवता. हें उदक कुळागारांत मेरो घालून आडायता. आनी कुणग्यां-कुणग्यांनी आडायल्लें हें उदक मागीर कल्ल्याच्या आदारान झाडांक शिंपता. कुळागार शिंपणावळिची कार्यावळ दिसपट्टी करची लागता.

उदक शिंपपाचे काम सदचें तशें बरोच वेळ लागपी आशिल्ल्यान, शिंपतल्याक सोपेपण जावचें म्हणून ह्या कल्ल्याची उंचाय इतकी दवरता की तें उबो रावून शिपूंक मेळटा. तेचखातीर ताका धरपाचें ताचें तोंकय तशेंच लांब आसता आनी हातान धरपाक सोपें जावचें म्हणून पसरट आनी सुळसुळीत आसता. तशेंच ताचेखातीर वापरता तें लाकूड बऱ्या दर्जाचे पूण वजनाक ल्हव आसता. ताचें उदक भरून घेवपाचें सकयलें तोंक रूंद आनी उदक उरपा इतकी ताका खोलाय आसता. कल्ल्यान भरिल्लें उदक, हाताकडच्या तोंकाचेर दाब घालून शेवटिलें की तें लागींच आशिल्ल्या झाडा-मुळांत पावता. कल्ल्याची उदक शिंपणी ही एक कळाशी आसता आनी ती अणभवानच आत्मसात जाता.

– सं. मं.

कलय / कलयकार : कलय म्हणजे कथील (tin) धातू. हो धातुचो पातळ लेप तांब्या आनी पितुळी जेवणाच्या आयदनांक भितरल्यान काडटा. ह्या धातुच्या चकचकसाणिच्या गुणाक लागून एक तर ताका कळम येना. तेभायर तांब्या - पितुळच्या आयदनांतल्या अन्नाचो, तांब्या - पितुळच्या धातुकडेन संपर्क येतकर, तांचेमदीं रसायनीक क्रिया घडोवन जी अन्न बाधा जाताली, ती कलयच्या लेपाक लागून जायना. म्हणून आदल्या काळांत, जेन्ना तांब्या - पितुळचीं आयदनां सर्रास वापराताले तेन्ना ह्या आयदनांक भितरल्यान कलय काडप जाताली.

ही कलय काडपाक, आदल्या काळांत, आयदनां तयार करपी कांसार लोक घराकडेन येताले. तांकां कलयकार म्हणटाले. कलय काडपाचे प्रक्रियेंत पयलीं आयदनां भितरल्यान घासून पुसून नितळ



करतात. उप्रांत तें आयदन उज्यार दवरून तापयतात. जंय कलय काडूंक जाय ते सुवातेर नवसागराचो पिठो फाफडून ताचेर कलय धातुचो कुडको फिरयतात. तापिल्ल्या आयदनाचेर कलय वितळताली, तेन्ना कलयकार, कपडयाच्या कुडक्यान आयदनभर त्या पातळ पदार्थाचो लेप काडटा. उप्रांत त्या आयदनांत थंड उदक घालता. थंड उदकाचे थंडसाणीन काडिल्लो लेप आयदनाच्या आंग घट्ट चिकट्टा.

कलय काडिल्लीं आयदनां वापरांत आयलीं म्हणटकीर आनी तांचें भितरल्यान घासप जालें म्हणटकीर, कलयचो लेप ल्हव ल्हव करून पातळ जाता आनी उप्रांत ना जाता. तेन्ना अशा यादनांक पर्थून कलय काडप जाता.

आयच्या काळांत अन्न शिजोवपाखातीर तांब्या-पितुळच्या आयदनांचो वापर खुपूच उणो जाला. तांची सुवात आतां स्टीलच्या आयदनांनी घेतल्या. ह्या आयदनांक कलय काडपाची गरज नासता. तेखातीर आतां कलय काडप आनी ते काडपी कलयकार दिसना जाल्या.

– सं. मं.

कलश : (कळस, कोळस, कुंभ) : धार्मीक अधिष्ठान प्राप्त जाल्लें धातुचें एक वाटकुळें उबें आयदन. सर्व सामान्यतायेन कलश तांब्याचोच आसता, पूण धर्मपिठांनी वा गिरेस्तांकडेन रूप्या वा भांगराचो कलश पळोवंक मेळटा. वेव्हारीक भाशेंत ह्या आयदनाक चिंबू वा तांबयो म्हणटात. पूण जेन्ना हें आयदन धार्मीक विधिखातीर वापरप जाता, तेन्ना ताका 'कलश' म्हणटात. तशेंच सर्वसादारण चिंबू, तांबयापरस कलशाचो आकार मात्सो वेगळो आसता.

हेमाद्रीच्या व्रत खंडांत 'कलश' ह्या उतराची उत्पत्ती सांगल्या ती अशी :

कलं कलं गृहित्त्वाच देवानां विश्वकर्मणा।
निर्मितो य : सुरैर्यस्मात कलशस्तेन उच्चते।।

म्हणजे विश्वकर्म्यान देवांच्या कलेकलेचे ग्रहण करून निर्मिल्ल्यान ताका कलश म्हणटात. कालिकापुराणाप्रमाण, देव दैत्यांच्या क्षीर सागराच्या मंथनांतल्यान जेन्ना अमृत भायर आयलें तेन्ना तें दवरपाक विश्वकर्मान कलशाची निर्मिती केली.



धार्मिक आयदान

२७५

देव पुजेक ना हेर धार्मीक सुवाळ्या अंतर्गत देवकृत्यावेळार कलशाचें आयदन उदकांत भरून घेतात. ताच्या तोंडार पांच पानांचो आंब्याचो ताळे दवरून ताचेवयर श्रीफळ म्हणजे सोलिल्लो नाल्ल दवरता. कलशाक फूल, अक्षता, गंध घालून, मंत्रांचो उच्चार करून, कलशांतल्या उदकांत पावित्र्याची

देवळाचो कळस

स्थापना करता. हें मंत्रिल्लें उदक मागीर, देवा-मुर्तीक न्हांण, देवाक अर्पण करपाच्या वस्तुंचें, निवेद्याचें शुद्धीकरण करूंक वापरतात. तशेंच देव-पुजेची सांगता जातकीर, यजमानाक आशिर्वाद दिताना ताचेर आनी ताच्या घरच्यांचेर ह्या कलशांतले उदक पुरोयत शिंपडटा.

सर्वसादारण, सदचें आनी सादें पुजेवेळा एक वा दोन कलशांची स्थापना करता. यज्ञ, हवन, होम सारखिल्या खाशेल्या धार्मीक कृतिंनी ३,५, १२, २४ ह्या प्रमाणांत तर महारुद्रयाग, शतचंडी, साखऱ्या व्हड धार्मीक यागावेळार कलशांची संख्या शेकड्यांनी आसता.

म्हान व्यक्तिंचे स्वागत उदकांत भरिल्ल्या कुंभांगी (कलशांनी) करपाची प्रथा हिंदू समाजांत आसा. अलंकारीत रितीन सजयल्ले आनी उदकान भरिल्ले कुंभ हातांत धरून सवायशिणी बायलो, म्हान व्यक्तीच्या आगमनाचे वाटेर, दोनय वशयां उबीं रावून, म्हान व्यक्तिंचेर फुलां घालून तांचे स्वागत करता. उदकान भरिल्लो कलश हें समृद्धीचें चिन्न समजून कांय लोक आपल्या घराच्या प्रवेश - दारांत भरिल्ले कलश सदोदीत दवरतात. तशेंच पसरो, हॉटेल आनी हेर वेवसायीक आस्थापनांय अशा कलशाची स्थापना आपल्या आस्थापनाच्या देवघरांत करतात. राज्याभिशेक करताना कलशांचो उपेग करताले हिंदू समाजांत नवरात्रीच्या वेळार, णव दीस घट स्थापना करता आनी घटाक णव फुलां माळो अर्पण करतात. हो घट कलशाच्या रूपांत आसता. हिंदूंच्या धार्मीक वास्तुच्या शिखरांचेर गोपूर - कलश धार्मीक विधी करून स्थापीत करता. हे कलश, लाकूड, रुपें वा भांगराचे आसता. तेचप्रमाण द्रवीड शैलिच्या देवळांक अनेक (१०० मेरेन) कलश आसता. तशेंच अशे कलश मशीद, चर्च हाच्या माथ्यारच बसता.

पुरक नोंद : करवली, करो.

- अरुण उभयकार

कलांगण : पळयात : सोझारियो एरीक

2-75

कवठ : पळयात : तांतीं

कवडी १ : एक तरेचें बांदावळिचे दार. खोपिचे बांदावळिचे तरेक लागून, तिका दरवज बसोवंक मेळना जाल्ल्यान थंय लाकडाचें दार बसना. अशे खोपीक कवडिचें दार बसयता. कोंड्याचे बसकेंत (फ्रेमींत) चुडट्यो वा तण बसोवन, सुंबाचे दोरयेच्या आधारान चवकोनी कवडी तयार करता. खोंपींत भितर – भायर सरपाची मेकळी सुवात धापपाइतको कवडेचो आकार दवरता. हे मेकळे सुवातेचे ऐकवटेन सुंबाच्या दोरयेन, कवडेन उबी करून बांदून घेता. कवडी दारासारखी उक्ती, बंद जावपाक सोपी जावंची म्हणून हें बांदप थोडें सदळ दवरता. कवडी धांपले उप्रांत तिका बंद करून दवरचे खातीर दुसरेवटेन सुंबाचो दोर बांदता. ह्या दोरावरवीं कवडी खोंपीक बांदून दवरूंक मेळटा. हें बांदप दाराचे खिळयेसारखे काम करता. आजय जंय खोपी आसात थंय अशे कवडेचो दार म्हणून उपेग जाता

– सं. मं.

कवडी २ : आदल्या काळांतलें उण्या मोलाचें एक नाणें. कवडी ह्या नाण्यावयल्यान कोंकणीत एक म्हण आसा ती अशी : 'किरवटीक ना कवडी आनी भायर सरला करूंक भोंवडी.' जेन्ना फाव तें धन वा बळगें नासताना कोणय व्हडलें खर्चीक कामं करूंक सोदता तेन्ना ही म्हण वापरतात.

– सं. मं.

कवड्यो दवरप : पळयात : घाडी

कवळेकार, कुमुदिनी दामोदर (कुमुद पैंगिणकार): (जल्म : २० डिसेंबर १९३६, पुणे)

गोंयची सुटके झुजारी. तिणें माध्यमिक शिक्षण मराठींतल्यान घेतलें. ती 'राष्ट्रीय काँग्रेस गोंय' संघटनेची वांगडी आसली. ६ एप्रील १९५५ दिसा सुटके झुजारी सुधाताई जोशी हिच्या फुडारपणाखाला म्हापशें वाठारांत सत्याग्रह जाल्लो, तातूंत तिणें वांटो घेतिल्लो. पोर्तुगेज पोलिसांनी तिका अटक केली आनी दोन म्हयनें बंदखणींत दवरून उपरांत तिची सुटका केली. बंदखणिंतल्यान सुटका जातकच ती परती राष्ट्रीय कार्यांनी वांटो घेवंक लागली. रोखडीच पोलिसांनी तिका परत अटक केली आनी आठ वर्सां बंदखणिची ख्यास्त फर्मायली. पणजी, केपें आनी मडगांव बंदखणींत चार वर्सां खास्त भोगतकच १९ ऑगस्त १९५९ दिसा तिची सुटका जाली. उपरांत कारवार जाल्ल्या सेवा दलाचे चळवळींत तिणें वांटो घेतिल्लो. गोंयचे सुटके उपरांत आकें ग्रामपंचायतीची वांगडी पंच म्हूण ती वेंचून आयिल्ली. १९७६ वर्सा मडगांव नगरपालिकेंत नगरसेविका म्हूण ती वेंचून आयली. भारत सरकारान ताम्रपत्र दिवन तिचो भोवमान केला. १८ जून १९८२ ह्या दिसा गोंय सरकारान सुटके झुजांतल्या तिच्या वावराचो भोवमान केलो.

– सं. मं.

कवळें मठ (श्री. गौडपादाचार्य मठ कैवल्यपूर) : गौड सारस्वत ब्राह्मणांचें मुखेल धर्मपीठ. ह्या मठाची स्थापना श्रीमत विवरणानंद हाणें केली. शुकाचो शिश्य श्रीमत गौडपादाचार्य हाचें नांव

श्रीमद् गौडपादाचार्य स्वामी

उपनिषदांतल्या अद्वैत सिद्धांताचे प्रतिपादन करपी पुर्विल्ल्या आचार्यांत उंचेल्या पदार मेळटा. ताणें मांडुक्य उपनिषदाचेर ''गौडपाद कारीका'' हो ग्रंथ बरोवन अद्वैत सिद्धांत भौसामुखार मांडलो.

गौडपादाचार्यांच्या काळांत उत्तर भारतावरीच अपरांत भागांत जैन तशेंच बौद्धधर्माच्या वर्चस्वाक लागून वैदीक धर्म दुबळो जावंक पावलो. वैदीक धर्माचे प्रतिशठापनेच्या उद्देशान आद्य शंकराचार्य हागें अद्वैत सिद्धांताचो ज्ञानमार्ग संवसारामुखार दवरलो.

श्रीमद गौडपादाचार्याचो शिश्य श्रीमत् गोविंदपादाचार्य हाका दोन शिश्य विवरणानंद आनी आद्य शंकराचार्य. आद्य शंकराचार्यान आख्ख्या भारतात भोंवडी केली आनी श्रृंगेरी द्वारका, बद्री, पुरी आनी कांची हांगा पांच मुखेल मठ स्थापन केले. तशेंच श्रीमंत विवरणानंदान गोंयांत, कुठ्ठाळे मठ उबारून सारस्वतांचे गुरूपीठ स्थापन केले. फुडें पुर्तुगेजां तेंपार जाल्ले बाटाबाटींत (१५६०-१५६७) हो मठ मागीर हिंदू अधिपत्याखाल आशिल्ल्या अंत्रूज म्हालांतल्या कवळें गांवांत वसयलो आनी तोच आज 'श्री संस्थान गौडपादाचार्य कवळें मठ' म्हूण नामनेक पावलो.

कुठ्ठाळचो आद्य मळ १६ व्या शेंकडयांत पुर्तुगेजांनी मोडून उडयलो आनी थंयचो तेन्नाचो स्वामी गोंय सोडून काशीक वचून रावलो. सादारण ६०-७० वर्सांचो काळ असोच गेलो आनी अशा वेळार गोंयांतल्या सारस्वत समाजाक गुरू ना अशें जालें. तेन्ना मठानुयायी काशीक गेले आनी श्रीमत् भवानंद स्वामी महाराजाक गोंयांत परत येवचो म्हूण विनंती केली. मठानुयायांचे विनंतीक मान दिवन ताणें आपलो शिश्य श्रीमत् सच्चिदानंद हाका संन्यास दिवन गोंयांत धाडलो. इ. स. १६३० वर्सा काशीच्या पंचगंगा घाटार सच्चिदानंद स्वामीचो पट्टाभिशेक जालो. श्रीमंत सच्चिदानंद स्वामी रोकडोच आपल्या गुरूच्या आदेशान गोंयांत आयलो आनी श्री शांतादुर्गा देवीची सासाय आशिल्ल्या कवळें वाठारांत मठाची स्थापणूक केली. ह्या मठाचे धर्मगुरू आपल्या नांवामुखार श्रीमद गौडपादाचार्य हें आद्य धर्मगुरूच्या नांवाचें बिरूद (पद) लायतात. 'गौड' ह्या उतराक 'पाद' हें आदरार्थी उतर जोडून 'गौडपाद' आनी फुडें 'आचार्य' हीं उपाधी लावन गौडपादाचार्य हें उतर घोळणुकेंत उरलें.

कवळें मठ हो स्मार्त संप्रदायी आनी अद्वैत मताचो पुरस्कार करता. श्री शांतादुर्गा, कवळें, श्री मंगेश, मंगेशी, श्री महालक्ष्मी, बांदोडें, श्री नागेश, नागेशी, श्री सप्तकोटेश्वर, नार्वे आनी श्री गणपती, खांडोळें हांगासल्या देवळांनी स्मार्त म्हाजन कवळे मठाचे अनुयायी म्हूण वावुरतात. रूद्राध्याय, भस्मधारणा, रुद्राक्ष धारणां हें स्मार्त संप्रदायचें मुखेल आंग आसून शिवलिंग पुजन, पार्थिवपुजा, बेलपत्र हांकां खुबशें

म्हत्व आसा.

कवळें मठाचें आराध्यदैवत श्री भवानीशंकर. हांगा पंचातनाची पुजा त्रिकाल चलता. श्री भवानी शंकरावांगडाच मुरलीधर श्रीकृष्ण, देवी, गणपती, आनी शाळीग्रामाचीय पुजा हांगा जाता. ह्या मठाचेवतीन गौडपादाचार्य संस्कृत पाठशाळा चलता



श्रीमद् सच्चिदानंद सरस्वती स्वामी

आनी थंय विद्वान जाणकारांकडल्यान वेदशास्त्रांचें शिक्षण दिवप जाता. आषाढी आनी कार्तिकी एकादस, गणपती उत्सव, तेभायर संवसार पाडवो, अक्षय तृतीया, नागपंचम, गोकुळाष्टम आनी चार्तुमासांतली एकादस हे मठांतले म्हत्वाचे उत्सव. हाचेंच वांगडा कवळें मठांत समाधी घेतिल्ल्या धर्मगुरूंच्यो पुण्यतिथी दर वर्सा मनोवप जातात. दर दिसा नित्य नेमान त्रिकाल पुजा, संतर्पण आदी धार्मिक कृत्यां दितात. दर वर्सा चैत्र शुद्ध प्रतिपदेक श्री शांतादुर्गा कवळें देवस्थानांत वसंत पुजा आनी दर वर्सा माघ उमाशेदिसा श्री मंगेश देवस्थानांत महाशिवरात्र मठाचेवतीन करतात. मठाचो कारभार मठशिश्यांचे समितीवतीन पळोवप जाता आनी खर्च मठाच्या मालकिच्या जमीन जुमल्याचे येणावळिंतल्यान तशेंच लोकांचे देणगिंतल्यान जाता. सुरवेक सांवन कवळें मठाक राज्य मान्यता मेळून जहांगिरी आनी वतनां सुटिल्लीं आसात. पुर्विल्या राजांकडल्यान आनी संस्थानिकांकडल्यान मठाक जागे, वतनां आनी अनुदानां मेळ्ळ्यांत तीं अशीं : पेशवे सरकार, ग्वाल्हेर, सत्तरीचे राणे, सौंदेकार संस्थान, छत्रपती शाहू महाराज भोसले, वाडी संस्थान, औरंगजेब बादशहा सरकार, पोर्तुगेज सरकार. पोर्तुगेज सरकाराकडल्यान मठाक हक्काची रक्कम दरवर्सा मेळटाली आनी मठाक कायदेशीर हिंदूधर्म संस्था म्हणून मान्यताय आशिल्ली. हाचेंभायर श्री शांतादुर्गा संस्थान आनी श्री मंगेश संस्था हांगा जावपी धर्मकृत्यांच्या वर्गणिचो थरावीक हिस्सो देणगिच्या रूपान मठाक प्राप्त जाता.

कवळेंचो मठ हो मुखेल गौडपदाचार्य मठ आसून पुराय देशांत तांच्यो शाखा आसात. महाराष्ट्रांत – वाळकेश्वर, मुंबय, सोनवडे, गोळवन, नाशीक आनी चिंदर कर्नाटकांत खानापूर, बेळगांव, सदाशिवगड, हळगे, गोकर्ण, अंकोला, तशेंच दिल्ली, काशी, ब्रह्मवर्त, रामेश्वर आनी गोंयांत सांखळी हांगा आसात.

मुखेल कवळेंच्या मराठी मांडावळ अशी आसा मर्दी श्री विठ्ठल रखुमाईचें देवूळ आनी थंयच भोंवतणी गौडपादाचार्य परंपरेतल्या श्री शिवानंद सरस्वती, श्री रामानंद सरस्वती, श्री पुर्णानंद सरस्वती, श्री आत्मानंद सरस्वती, श्री पुर्णानंद सरस्वती (दुसरो) आनी श्री रामानंद सरस्वती) (दुसरो) अशो ६ समाधी आसात. बाकीच्याय मठांत अशोच समाधी आसात आनी वट्ट मेळून सगळ्या मठांनी २५ समाधी आसात.

श्री सच्चीदानंद हाचेंपसून कवळेंमठाची आचार्य परंपरा सुरू जाता. ते उपरांत ते आयजमेरेन ह्या मठाचे २२ धर्मगुरू जाले. तांची नांवां अशी : सच्चिदानंद, शिवानंद, आत्मानंद, ब्रह्मानंद, रामानंद, पुर्णानंद, सदानंद, लिलानंद, जोतिरानंद, रामानंद, शुभानंद, आत्मानंद, सच्चिदानंद, सदानंद, ब्रह्मानंद, पुर्णानंद, रामानंद, शिवानंद, आत्मानंद, पुर्णानंद, रामानंद, सच्चिदानंद आनी शिवानंद.

सद्या विद्यमानाचे स्वामी श्रीमत सच्चिदानंद सरस्वती (७७ वो) हाका १९५० त आश्रम दिलो आनी परंपरेप्रमाण ताणें २ मार्च १९९४ ह्या दिसा

मुखेल मठ – कवळें, फोडें – गोंय

श्रीमत शिवानंद सरस्वती हाका दिक्षा दिवन श्री गौडपादाचार्य संस्थानाचो उत्तराधिकारी नेमलो.

मुखेल मठ म्हळ्यारुच कैवल्यपूर कवळें, फोंडे – गोंय धरून भारतांत १२ मठ भवन आसात. ते अशें :-

१) मुखेल मठ – कैवल्यपूर कवळें, फोंडे – गोंय,
२) श्री क्षेत्र काशी मठ – काशी,
३) श्री ब्रह्मावर्त मठ,
४) श्री क्षेत्र नाशीक मठ,
५) श्री वाळकेश्वर मठ – मुंबय,
६) श्री गौडपादाचार्य मठ – खानापूर – बेळगांव,
७) श्री गौडपादाचार्य मठ – सांखळी – गोंय,
८) श्री गौडपादाचार्य मठ – चिमार मठ – सलासी,
९) श्री गौडपादाचार्य मठ – गोळवण – मठ,
१०) श्री गौडपादाचार्य मठ–सदाशिवगड–कारवार,
११) श्री गौडपादाचार्य मठ – हळगे – कारवार,
१२) श्री क्षेत्र गोकर्ण मठ–गोकर्ण, कारवार जिल्लो.

बाराय मठांमदल्या कारवार तालुक्यांत सदाशिवगड ह्या मठाशिवट्टा ह्या वाड्यार हो आसा. तसोच दुसरो मठ ह्या तालुक्यांत ३ कि. मी. अंतरार आशिल्ल्या 'हळगे' ह्या गांवांत आसा. सदाशिवगड हांगा आशिल्लो मठ सन १७९३ वर्सा श्रीमद् शिवानंद स्वामीजी हाणें बांदिल्लो. ह्या मठांत शारदाल्दा देवीची मुर्ती ताणेंच स्थापन केल्ली. आनी मठांतूय ताचीच समाधी आसा. 'हळगे' मठांत खंयच्याच स्वामीची समाधी ना तर श्री विठ्ठल विरेश्वर हाची मुर्ती आसा. दर माघ आनी फाल्गून म्हयन्यांत हांगा पालखी उत्सव जाता.

– सं. मं.
– संदेश श्री. बांदेकार

कवासो (हातो, केगद, केतकी) : (मराठी – केवडा, केतकी, हिंदी – केवरा, केटंगी, गुजराती – केवडो, कन्नड – केदगे, मुंडिगे, संस्कृत – केतक, गंध – पुष्प, इंग्लीश – स्क्रू पाइन, लॅटिन – पॅडॅनस ओडोरॅटिसीमस, कूळ – पँडॅनेसी)

भारतीय द्वीपकल्पाचे उदेंत आनी अस्तंत देगेर, तेचपरी ओरिसा, मध्यप्रदेश, सुंदरबान, ब्रह्मदेश, अंदमान जुंवे आदी वाठारांनी कवासो जाता.

कवाशाक 'हातो' अशेंय म्हण्टात.

कवाशाचें झाड सावें उदक आशिल्ल्या न्हंया – व्हाळांचे देगेर जाता. ताका झाड म्हणचे बदला 'झील' म्हणपच समा जातलें. ताचें कांड लांबट, वाटकुळें आसता. मूळ कांडाक खांदयो चड नासतात. फांट्याक मात चड आसतात. पानां सुकून झडटकच कांडाक वाटकुळे कांकणांभशेन दाग पडटात. ह्या दागांच्या मुळांवेल्यानूच नवें कोंब फुटटात, उपरांत ह्या कोंबांची खांदी जाता. दोन पानांमदीं जागो साप उणो आशिल्ल्यान, पयसुल्यान पळेतल्याक कवाशाचें झाड म्हळ्यार सगळीं पानांच पानां कशें दिसता.

कांडाच्या मुळाकडल्या भागाक भायल्यान बारीक – बारीक लांब पाळां येतात. ह्या पाळांचो अर्दो भाग जमनींत भितर वता जाल्यार अर्दो भाग वयर दिसता. हीं पाळां खूब बारीक – बारीक आशिल्ल्यान तीं झाडाक घट धरतात, तशेंच हीं पाळां मातयेक घट बसतात, देखून माती व्हांवन वचूंक पावना.

कवाश्याच्या पानांचो रंग पाचवो आसून तीं लांब आसतात. ताच्यो दोनूय कुशी पातळ ब्लेडीभशेन आसतात. खरवतीच्या दातांभशेन त्यो खरखरीत आसतात. पानांक मदीं एक कांट्याळी शीर आसता.

कवाशाचें झाड तेंगशेर फुलता. सादारणपणान जाका लोक कवशाचें फूल म्हण्टात तें खरेंपणान एक बोण, केळीच्या बोणाभशेन ह्याच बोणाक चारुय कुशींनी एकार एक अशीं पातीं दाटिल्लीं आसतात. ह्या पातयांचो रंग हळडुवो आसून दर एके पातयेपोंदा एक एक स्वतंत्र फूल आसता. कवाशाची ही पाती म्हळ्यार एक पानच. पूण तें फुलावांगडा आशिल्ल्यान ताचो रंग हळडुवो आसता.

सगळ्यांत वयली कवाशाची पाती आनी ते पातये पोंदचें फूल आकारन मोटें, रंगान गाड आनी वासान बरें आसता. जशीं – जशीं एक – एक पाती काडली, तसो – तसो पातयेचो आनी फुलाचो आकार, रंग आनी गंध कमी – कमी जायत वता. बारीक – बारीक कुसां अशिल्लें कवाशाचें फूल पळोवपाक एक कणस कशें दिसता. हें कणस फांफडीत जाल्यार तातुंतल्यान धवो पिठो कसो झडटा.

फूल काडनासतना उरलें जाल्यार ताच्यापसून अनसासारकें दिसपी फळ जाता. हें फळ पिकतकच फुटनासना आपोआप सुकूंक लागता. कवाशाच्या फुलांचो बायलांक माळपाखातीर आनी देवाक घालपाखातीर उपेग जाता. पुराय तयार जाल्ल्या कवाशाच्या फुलांपसून तेल काडटात. ह्या तेलापासून कवाशाचें अत्तर तयार करतात. पुर्विल्या काळार लेगीत हें अत्तर लोक काडटाले शाबू, सौंदर्यसाधनां, तंबाखू, उसवाती हातूंत वासाखातीर ह्या तेलाचो उपेग जाता. जेवणा–खाणाच्या कांय पदार्थांतूय वास हाडपाखातीर ह्या तेलाचो वापर करतात. तकली उसळप आनी संधीवात ह्या सारख्या दुखण्यांचेर कवाशाच्या तेलाचो उपेग जाता.

कवाशाच्या पानाचो कुडको जर शीत करतना घातलो जाल्यार शीताक आंबेमोहोराचो वास येता.

कवाशाच्या पानापसून घराचें पाखें, शेंदऱ्यो, दोरयो, तोपयो, पांटले, पोतयो ह्यो वस्तू तयार करतात. मुळांपसून रंगोवपाचे ब्रश करतात. तशेंच देवी, कुश्टरोग, उपदंश, खोरोज, कोड आर्दी पिडा बरी करपाक कवाशाच्या पानांचो उपेग जाता.

वैजकी उपचार करताना जाणकाराच्या मार्गदर्शनाखाला करूंक जाय.

– सं. मं.

कव्वाली : इस्लामी कंठसंगितांतलो भारतांत रुजिल्लो एक भक्तीप्रधान संगीत प्रकार. भारतांत रूढ जाल्ल्या भजनांचें अनुकरण करून पर्शियन संगीत शैलींत केल्ली मांडावळ म्हळ्यार 'कव्वाली' अशेंय म्हणटात. कव्वालीच्यो रचना धार्मीक तेचपरी लौकीक आसतात. लौकीक विशयांच्यो रचना गावप्यांक 'कलावंत' आनी धर्मीक विशयांच्यो रचना गावप्यांक 'कव्वाल' अशें म्हणटात. ''कौल'' म्हणजे सांगप, उलोवप, प्रशंसा करप. ह्या फारसी शब्दावयल्यान ''कव्वाल'' हो शब्द आयला. कव्वाली ह्या गीतप्रकाराचो अविश्कार पयलेच फावट इराणांत जालो. कव्वाली म्हळ्यार रागरागिणी न्हय, तर ती एक विशिश्ट प्रकारची धून. भारतांत कव्वाली गायनाची पद्धत ख्वाजा मोइनुद्दीन चिश्ती (इ. स. ११४२-१२३६) हाणें हाडल्या अशें म्हणटात. कव्वाली ह्या प्रकारापसून स्फूर्त घेवन अमीर खुसरौ (१२५३-१३२५) हाणें शास्त्रीय संगितांतल्या 'ख्याल' ह्या कंठसंगीत प्रकाराची उदरगत केली अशें म्हणटात.

सूफी पंथांपसून कव्वालीचो प्रसार जालो आनी तो लोकप्रिय जाली. कालांतरान गावप्यांचो एक वर्गूच निर्माण जालो आनी तो सूफींच्या उपासना सभेंत गावपाचें काम करूंक लागलो. आदीं हें कव्वाली गायक सूफी पंथांचे साधक आशिल्ले, पूण उपरांत पेशेवार जाले.

कव्वालीचे मुखेल तीन वांटे आसातच :

१) हम्द - हातूंत परमात्म प्रशंसेची गीतां आसतात २) नात - हातूंत रसूलची (देवदूताची) प्रशंसा आसतात आनी ३) मनकबत - हातूंत औलियांचे (देवाक प्रिय व्यक्तींचे) वर्णन आनी रसूलच्या वंशजांची प्रशंसा आसता.

तानसेनाचो प्रभाव वाडचे आदीं धृपद गावपी, कलावंत आनी कव्वाल हांकां एकाच पांवड्याचेर मानताले.

कव्वाली सवाल-जवाब

आधुनीक कव्वालींत दोन पंगडांकडल्यान, गायनाच्या माध्यमांतल्यान, सवाल - जवाब (प्रस्नोत्तरी) करपाचीय कार्यावळ आस्पावता आनी ती कव्वालीचें खाशेलें आकर्शण आसता. मुसलमानाच्या धार्मीक कार्यावळिंनी आनी विशेष करून उरुसांनी जावपी कव्वालीची कार्यावळ ही धार्मीक तशी मनोरंजनात्मक आसता.

- सं. मं.

कविता : पळयात : साहित्य कोंकणी

कसाय : एक गांवठी (घरगुती) झाडापाल्याचें वखद. आदल्या तेंपार थंडे – भारखुण्याक घरचे घरा उपचार करप जातालें. तातुंतलो एक घरोघरी जातालो तो म्हटल्यार 'कसाय'. कसाय म्हणजे तुळशिचीं केंसरा, पुनरनवा, परीपाटाच्यो पाती, खाजराच्यो बोयो वा दाको (द्राक्षां) उदकांत घालून शिजयल्ले अर्क. कसाय हुनहुनीत पिवचो आसता. कसायांतल्या वखदी जिन्नसांचो परिणाम आनी जोडयेक हुनहुनीत अर्क हांकां लागून, थंडी – जोर आयिल्ल्याक मुत्तूंक जावप, घाम येवप, पोट साफ जावप ह्या क्रियांतल्यान भलायकी सुदारताली.

थंडी, जोर, खोकली, पोटखणे, अशा वेगवेगळ्या पिडांखातीर वेगवेगळ्या बनस्पतिंचो वापर करून कसाय करताले. आतां आधुनीक वखदां फार्मासींत उपलब्ध आसात. तशेंच झाडा–पाल्यापासून केल्लीं तयार आयुर्वेदीक वखदांय फार्मासींत मेळटात. तेभायर घरगुती उपचार करपाइतकी लोकांकडेन फुरसद ना. आनी तशें गिन्यानय आतांचे पिळगेकडेन नाशिल्ल्यान आतां घरचे घरा कसाय करप जायना.

– डॉ. भिकाजी घाणेकार

कळपुटी : एक मांसाहारी पदार्थ : ६ लोकांखातीर लागपी जिन्नस – १ व्हडली जावं २ ल्हान, व्हडल्या नुस्त्याचो शेश्ट्यो तकल्यो. १ $\frac{1}{2}$ वाटी कातिल्ली सोय, १ व्हडलो चमचो मिरयां पिठो, १ ल्हान चमचो हळडी पिठो, ८ सोलां, ३ मध्यम कांदे, १ व्हडलो चमचो चिरिल्लो कोथमिरिचो पालो, १ व्हडलो चमचो मिरसांगे पिठो, रूची पुरतें मीठ

करपाची पद्धत –

व्हडल्या नुस्त्यांच्यो शेश्ट्यो, दोनूय बाजूंनी आशिल्लीं घट्ट गालफडांकाडून वडोवपाची, आनी राविल्ल्या भागाचे व्हडले कुडके करात. मीठ लावंन १५ मिनटांनी धुवपाचे. कांदो बारीक चिरून सगळें साहित्य आनी तकलेचे कुडके एकठांय करपाचे. थोडे उदक घालपाचें. मंद उज्यार कांदो शिजोवन उदक आटेमेरेन शिजेवपाचें. आनी वयल्यान कोथमिरिचो चिरिल्लो पालो घालपाचो.

कळपुटी ही गोंयकाराचीं विशेशताय. चणाक, धोडयारो, शेंवटो, विस्वण अशा व्हडल्या नुस्त्यांच्यो शेश्ट्यो – तकल्यो घालून केल्लो हो जिन्नस. खुबशा गोंयकारांक हो जिन्नस खूब आवडटा. ते रूचीन खातात. कळपुटी ह्या प्रकारांत नुस्त्याच्यो तकलेकडची मांसाळ भाग वापरून कळपुटी हो सुको प्रकार करतात. नुस्त्याच्या तकलेक विशेश रूच आसता. पूण बारीक नुस्त्याच्या शेश्ट्यांची कळपुटी करिनात.

– श्रीमती सुधा सुरेश आमोणकर

कळशी फुगडी : पळयात : फुगडी

कळस १ : कोळसो, कळशी वा कळसुली. कलश ह्या मूळ संस्कृत उतरावेल्यान कोंकणींत आयिल्लें उतर. भारतीय शिल्पकलेंत देवळां, राजवाडे, मनोरे हांच्या तेंगशेर बसयिल्लें कळशाच्या आकाराचें शिल्प ताका कळस म्हणटात. भारतीय शिल्पांत कळस हो वाटकुळो नाजाल्यार अंडाकृती (तांतयांच्या आकाराचो) आसता. गांधार शिल्पांत तो तोकदार आसता. कमळांच्या नक्षींचें पडबिंब सांची, अमरावती, भरहूत हांगासल्ल्या बौद्ध शिल्पांत दिसता

कळस २ : गोंयच्या गांवगिऱ्या वाठारांत मनयतात तो एक उत्सव. ताका कळस वा कळसोत्सव अशें म्हणटात. सगल्यांत प्रसिद्ध आशिल्लो कळस उत्सव उत्तर गोंयांत पेडणे म्हालांतल्या मोरजी गांवांत मनयतात. दर पांच, सात, णव नाजाल्यार इकरा वर्सांनी तो जाता. मोरजाय हीं ह्या गांवची मुख्य देवता. ती सप्तमातृकांतली एक म्हाल - मातृका, कळस उत्सवांत पवित्र कोळशांत उदक भरून कळसामागरांत स्थापन करून ताची व्रत-उपासना करीत पुजा करतात आनी उत्सव मनयतात. त्यानिमतान म्हयनोभर पयलीं उत्सवाचो विधीपूर्वक आरंभ जाता. उत्सव मनोवपावेळार पेरण्याक काटकारावरवीं आमंत्रण धाडतात. ताका आफोवन उत्सवाची तिथी म्हाजन सांगतात. मागीर व्रताचरण सुरू जाता. त्यावेळार पेरण्याबराबर गुरव दांपत्य आनी परब दांपत्य आसता. ते पेरण्याची सरबराय करतात. गुरव रांदता - वाडटा, मडवळ वस्त्रां धुवन दिता, भावीण सान्न - शिंतोडो करता, हरशीं मोरजाईचो पुजारी गुरव हो कळस आपल्या घरांतल्या 'मूळस्थानार पुजता' पूण कळस उत्सवानिमतान तो मूळस्थानावेल्यान हाडून कळसा - मांगरांत वेदीचेर बसयतात. ह्या विधींखातीर गांवचो गुरव आनी परब ह्या दांपत्य आनी पेरणी म्हयनोभर कडकडीत व्रताचार करतात. व्रत - उपासनेचो वांटो म्हण शिवराक जेवण जेवप, पान, तंबाकू आनी सोरो वर्ज्य आसता. गुरव, परब आनी पेरणी हांणी उपासनाकाळांत ब्रह्मचर्य पाळचें पडटा.

कळस उत्सवाच्या निमतान एक सप्तकभर रातचो 'पेरणी भरीप' नांवाचो विधी नाच जाता. रातचे णव ते धा वरांभितर तो जाता. तांतल्यो तीन राती मोरजाईच्या मुखेल देवळाच्या सभामंडपांत पेरणी भरीप जाता. उरिल्ल्यो चार राती ब्राह्मण, भूमिका, सत्पुरुष आनी कळसा-मांगरांत जाता. पेरणी भरीप हो विधी होरसावणेन सुरू जाता होरसावणी म्हळ्यार मोरजाय, मिलाग्र, लयराय, केळबाय, म्हामाय, शितळाय आनी सीताय ह्यो सप्तमातृका (सात भयणी) आनी तांचो एकलो एकसुरो भाव खेतोबा वा खेतलो हांकां गीतरुपान घाल्लें गाराणे. तें गायतात पेरणी, गुरव दांपत्य आनी परब दांपत्य. गांवचे म्हार, वाजंत्री धोल आनी ताशे वाजोवन गायनाक सांगात करतात.

होरसावणी सोंपल्याउप्रांत पेरणी वाजंत्र्यासैत मिरवणुकीन कळसामांगरांतल्यान शेजारच्या मोरजाय देवळाच्या सभामंडपांत येता. ताचेवांगडा दिवटी घेवपी वाट दाखयतात. पेरणी आपल्या उजव्या मणगटाक पिटकुळेफुलांची माळ रेवडावन येता. धवें पुडवें आनी माथ्याक मुंडाशें गळ्यांत फुलांमाळ, कपलाक कुकमातिबो अशा भेसांत पेरणी सभामंडपांत पावता. तेन्ना थंय धवें पुडवें लावन 'भरीप विधी' करपाखातीर जागो राखून दवरिल्लो आसता. ह्या जाग्यार रुपड्यांचो पेटारो आनी दिवली दवरिल्ली आसता. पेरण्याच्या आगमनाबराबर देवळाची भावीण दिवली पेटयता. ताचेउप्रांत दिवट्याकडली दिवटी घेवन पेरणी दोनूय हातांनी ती मोरजायच्या मूर्तीसामकारा हात जोडिल्यावरी उबारून धरता. तो देवीक गाराणे घालता. गाराणे सोंपतगीच पेरणी दिवट्याकडेन दिवटी दिता. आपल्या हाताक रेवडायिल्ली पिटकुळे फुलांची माळ हातांत देवीमुखार धरून परत गाराणे घालता. गाराणे सोंपलेउप्रांत ती माळ दिवलेक घालता आनी त्याच खिणाक ताचेर भार आयिल्ल्यान ताका वांगडी उखलून घेतात आनी कळसा - मांगरांत हाडटात. भार आयिल्ल्या खिणाक एक कोंबडे पिल ताचे पायांकडेन बळी दितात.

पेरण्याक मांगरांत व्हरतगीच देवळाच्या म्हाजन आनी वांगड्यांतले तरणाटे पेटाऱ्यांतलें एकेक रुपडें तोंडार धरून गायन-वादनाच्या (धोल आनी कांसाळें) सांगतान नाच करतात. रुपड्यांचो अनुक्रम धरिल्लो आसता. तो असो : गणपती, होळयो (ओळयो), नर्तकी, हनुमान आनी निमणी दोन रुपडीं घालून दोगजाण बराबर नाचत येतात. तांची नांवां गांवचे जाणकार सांगूक शकलेनात.

हीं रुपडीं घालून नाचतगीर कांय जाण शुद्धीभायर जातात. पूण तांचेर देवीचें तीर्थ फाफुटगीर ते सावशीद जातात. भेस बदलपाखातीर आनी बेशुद्ध जाल्ल्यांक कुशीक काडपाखातीर चादर वा कपडो पड्डो म्हण वापरतात. ही भरीपाची कार्यावळ सुमार तासभर चलता. पळोवपाखातीर जमिल्ले सगले लोक मागीर देवळाभोवतणच्या दुकानां - मांड हांचो आस्वाद घेतात.

फुडली म्हत्वाची कार्यावळ म्हळ्यार महिषासूर - मर्दन. ती फांतोडेर जावपाची आसता. महिषासुरमर्दनाच्या ह्या विधीनाचांत मोरजाय महिषासुराचो वध करता. हो देखाव देवळाच्या प्रदक्षणेच्या वाठारांत आनी सभामंडपांत जाता. गांवचो गुरव महिषासूरमर्दिनीचो भेस करता. कापड, पोलको, शेलो, लांब केस, मुकूट, गळ्यांत हार, कमरपट्टो, एका हातांत तलवार, दुसऱ्या हातांत ढाल, कपलार कुकमातिबो असो तो भेस आसता. पेरणी महिषासुराचे सवंग हाडटा. कळसा - मांगरांत पेरण्याक महिषासुराचें (रेडयाचें) रुपडें चडयतात. कोंड्याच्या कांबटांनी रेड्याची व्हड आकृती तयार करतात. ताचेर फावो तसो कपडो लावन ताचेर वयर रेड्याचे रुपडें लायतात. ही पुराय आकृती चार मनशां उबारून धरतात. आनी तांचेमदलीं पेरणी धवें पुडवें आनी माथ्याक मुंडाशें बांदून लढायेच्या आवेशांत धोल - ताशांच्या रणवादनाच्या तालार पावलां मारता. तेचप्रमाण महिषासूरमर्दिनी धोल-ताशांच्या तालार भयांकृत नाचता. दोगांचीय मोरजायेच्या देवळाभोवतणी एक प्रदक्षिणां जाता. फांतोड जायमेरेन ही प्रदक्षिणां पुराय जाता. मागीर दोगांय मिरवणुकीन सभामंडपांत येतात. पयलीं देवी येता. फाटोफाट महिषासूर देवळाच्या म्हालदरवंजाचेर पावतनाच देवी रेडयाचें रुपडें तलवारीन उडोवपाचो विधी करता. रेडयाचें रुपडें बेगोबेग काडून तें कुकमाउदकाच्या परातींत दवरतात. थंय वाजपां चालू आसतात. देवीचेर भार येता. तिका देवळांत व्हरून सावशिद करतात. रेडयाचें रुपडें काडलेउप्रांत पेरणी बेशुद्ध जाता. ताका चार जाण उखलून कळसा - मांगरांत व्हरतात आनी तो सावशीद जायमेरेन ताची देखभाल करतात. दुसऱ्या दिसा कळसा-मांगरांतलो कळस मूळस्थानाचेर स्थापन करतात आनी कळस उत्सवाची सांगता जाता.

- डॉ. पांडुरंग रा. फळदेसाय

कळी लावप/घेवप : पळयात : कौल(प्रासाद)

कांकण : हातांत घालपाचो एक अलंकार. : 'कंकणं करभूषणम्' = हाताचें भूशण म्हळ्यार 'कांकण'. कांकण हें बायलांच्या हाताचो मुखेल अलंकार. वलय, कंकण, चुडा, कटक, आवापक, परिहार्य अशीं नांवां पोरण्यां संस्कृत ग्रंथांत सापडटा. लग्नांपयलीं व्हंकलेक जीं काकणां भरतात, ताका

'लग्नचुडो' अशें म्हणटात. कांकण हो कुमारिका आनी सवायशीण बायलांचो एक मुखेल सौभाग्य अलंकार मानतात.

भारतीय समाजांत कांकणांक एक म्हत्वाची सुवात आसा. भारतांत बायलो पुर्विल्ल्या काळासांवन कांकणां वापरतात. मोहेंजोदारो हांगाच्या उत्खननांत मेळिल्ले एके बायल मुर्तीच्या हातांत कोपरामेरेन कांकणां घाल्लीं दिसतात. शुंग काळांतल्या चूलकोला, सुदर्शना, चंदा ह्या यक्षिणींच्या मुर्तींच्या हातांत कांकणां दिसतात. सांची हांगाच्या स्त्री-चित्रांत, गांधारमुर्तिकलेंत तशेंच अजंठा हांगाची कोरीव स्त्री मुर्तींत कांकणांचो आस्पाव आसा. बाणाचे कादंबरीत सरस्वती देवीन शंखाची कांकणांधारण केल्ल्याचो उल्लेख आसा.

भांगर, रूपें, पितूळ ह्या धातूंची तशेंच कंवचेचीं, शंखाचीं, प्लास्टिकचीं, लाकडी अशा कितल्याशाच तरांचीं कांकणां तयार करतात.पूण सगळ्या धर्म - संप्रदायांतल्यो बायलो कंवचेचीं कांकणां चड प्रमाणांत वापरतात. कारखान्यांत कंवचेचीं कांकणां तयार करपाखातीर रेंव, सोडा हे जिनस लागतात. कंवची चकचकीत जावंची म्हूण सोडियम नाइट्रेट, पॉटॅशियम नायट्रेट वा बोरॅक्स हीं रसायनां वापरतात.

रेंव, सोंडा टाकयेंत ('पॉट' नांवांच्या आयदनांत) घालून घोळयतात. हाका भराई (Stuffing) अशें म्हणटात. लाकडांच्या कोळशांच्या उज्याचेर सुमार १२०० ते १५०० सें. तापमानाचेर हें टांकयेंतले मिश्रण तापयतात. टाकयेंत भारिल्लो कच्चो माल वितळून ताचो रोस तयार जावपाक सुमार २४ वरां लागतात. रंगीत कंवची तयार करपाखातीर लागपी रंग आनी रंग घोळोवपाखीतर लागपी हेर रसायनां ह्याच वेळार रोसांत भरशितात. कडयल्ली निवळ कंवची वेगळी काडपाचे क्रियेंत निकासी (Clearance) अशें म्हणटात. कडयल्लो कंवचेचो रोस व्हडल्या दवल्यांनी ('लबिया') वेगळो काडटात. कंवचेचो रोस तीन पांवड्यांनी पद्धतशीर निवळायतकच (refine) शुद्ध निवळ कंवचीय मेळटा. ताका 'लोम' अशें म्हणटात. कडयल्ली कंवची (लोम) मेळटकच कांकणां तयार जायमेरेनचे सगळे क्रियेक 'गरम काम' अशें म्हणटात. हांगाच कांकणांक रंग, आकार, डिझाईन, दिवपाची खरी प्रक्रिया सुरू जाता. कांकणां एकरंगी वा बहुरंगी जसो प्रकार आसा ते प्रमाण फाव ते भाटयेर घालून तांकां जाय तशी गोलाय दितात. हालिंसारां चौकोनी, त्रिकोनी, अश्टकोनी, पंचकोनी आदी अशे तरेतरेचे कांकणांचे डिझाईन बाजरांत येवपाक लागल्यात. ह्या कांकणांक डिझाईन यंत्राचेर दितात.

सध्या प्रचारांत आशिल्ले कांकणांचे प्रकार अशे आसात. बुंदकी, खिरकिया, झरोखणी, सूरजमुखी, चन्दातारई, लोकतारनी. अशेतरेन कांकणां तयार करून जातकच तीं तपासतात. वाडवल्लीं, वेर गेल्लीं, फुटकीं काकणां वेगळी काडटात आनी विकपाक धाडपाचीं कांकणां २४ कांकणांचो एक 'दर्जन' (घोंस) अशीं मेजून बांदतात. १२ दजर्नांक म्हळ्यार २८८ कांकणाच्या घोंसाक हिंदींत 'गठ्ठो' वा 'तोडो' अशें म्हणटात.

भारतांतल्या कांय भागांत, चड करून आदिवासी जमातींनी बायलो कोंपरामेरेन कांकणां घालतात. बंगलांत शंखांचीं कांकणां हो सौभाग्याचो अलंकार अशें मानतात. पंजाबांत मंगल कार्यावेळार हत्ती दातांची कांकणां वापरपाची पद्धत आसा. लाखेची कांकणां खूब लोकप्रिय सात. नवें व्हंकलेक कांकणां आनी चुडो वज्राचो मेळचो, म्हळ्यार, आपल्याक अक्षय सौभाग्य मेळचें, अशी जण एके सौभाग्यवतीची

इत्सा आसता. तेखातीर ती व्रतां करता.

दरेक वाठारांतल्या लोकगीतांतल्यान बायलांची कांकणां आनी चुड्याविशींची ओड दिसून येता. देखीक : महाराष्ट्रांतली एक बायल आपल्या चुड्याखातीर म्हळ्यार सौभाग्य सासणाचें उरचेखातीर देवाकडेन अशी प्रार्थना करता.

'देई देवा मज। देशील तितुकें पुरे,
अक्षय माझे चुडे । जन्मवेरी॥
देवाच्या देऊळीं। उभी मी जागत्यें।
आयुष्य मागतें। चुडेयांना॥'

गोंयांत कांकणां विकप्यांक कांकणकार, कासार वा वळार (वलयकार) अशें म्हणटात. गोंयच्या धालांनी कांकणांचो उल्लेख आयला तो असो :

वळेरा
कांकणकारा वळारा
तुजी बायल गेली कुळारा
तुजी बायल गेली कुळारा
वचुनी तिका, वचुनी तिका
तांबडी साडी नेसुनी तिका
तांबडी साडी नेसुनी.
तांबडे साडयेच्यो मिरयो
लांब मिरयो
चक्क चोळयो
सरपळी
चक्क चोळयो सरपळी
साडी आशिल्ली काडी
भिजली तिजी साडी
भिजली तिजी साडी.

कोंकणांत, गिरेस्त बायलांच्या हातार जायते तरेचीं कांकणां दिसतात. तोडो, पाटली, पिडुकाचीं कांकणां, आनी हेर मोदींची कांकणां हीं भांगराचीं आसता. ह्या भांगराच्या वस्तीवांगडाच कंवचेंचीय कांकणां घालतात.

कांकण हें सवायशीणपणाचें (सौभाग्याचें) प्रतीक समजता आशिल्ल्यान, वाडवल्लें (तुटिल्लें – फुटिल्लें) कांकण हातार दवरप ना. तें दवरल्यार सौभाग्याक (घोवाक) बादीकार जाता असो समज आसा. घोव मरतकीर, घोवाचें मडें दाराभायर काडलें म्हणटकीर, बायलेच्या हातांतलीं कांकणां मडयार बळयां फोडून ती विधवा जाल्याचें दाखोवन दिता. आदल्या तेंपार घोव मेल्ली बायल सौभाग्याचें प्रतीक आशिल्लो कपलाचो तिबो, गळयांतलें मंगळसूत्र आनी हातांतली कांकणां घाली नासलीं. आधुनीक काळांत ही प्रथा, विशेश करून शारांनी, तितकिशी पाळप जायना. आधुनीक काळांतले नवी पिळगेंतल्यो चलयो, बायलो कांकणां सदच्या दिसांनी सर्रासपणान वापरिना. लग्न कार्यासारख्या खाशेल्या सुवळ्यांपुरती वापरतात. तशेंच सांस्कृतीक प्रतीक म्हणून वापरचेपरस एक फॅशन म्हणून कांकणां वापरप जाता. अशें आसलें तरी आजय हळडी कुंकू मावेळार, नवी व्हंकल सुर्वेच्या पांच हळडीकुकमांक नाल्ला वळें आनी मातये – बुडकुले, पिंजर, कांकणां, दातोणी आनी आरशी ह्यो सौभाग्याच्यो वस्ती वायनां म्हणून वाट्टात.

– सं. मं.

कांकणांकार (कांसार, वळार) : हातांत घालता तीं कांकणां गांवोंगांवीं विकपी मनीस. आदल्या काळांत बायलांच्या हातांत घालता तीं कंवचेचीं कांकणां घरोघर विकपी आसताले. तांकां कांसार वा कांकणांकार वा वळार म्हणटाले. तांब्या –



पितळेचीं आयदनां करपी वेवसायीक हे कांसार जातीचे आसताले आनी तेच तेन्ना कांकणांचीय निर्मिती आनी वितरण करताले. म्हणून कांकणांकाराक कांसार म्हणटाले जांवये. हे कांकणकार लाकडाचे खणांचे पेटयेंत कंवचेच्या कांकणांचे जोड दवरून ती पेटी कपड्याच्या आदारान फाटीर हुमकाळटाले. तिचेच जोडयेक कांकणां गुंथिल्ल्यो माळो घाल्ली एक कापडी पिशवीय आसताली. हे कांकणकार थारावीक काळांत विशेश करून सणां – परबां आर्दी गांवांनी पांयांनी भोवतालें. तेभायर लग्नांत व्हंकलेक पाचवो चुडो (कांकणांचो खाशेलो सट) घालपाक कांकणकाराक खास आमंत्रीत करतालें. कांकणां विकपाचें काम करताना, बायलांच्या हातांत कांकणां घालपाचें कामय तांचेंच आसतालें. तेखातीर वेगळो मोबदलो नासतालो. कांकणां घालताना जीं कांकणां वाडावताली (फुट्टालीं), त्या कांकणांचे पयशे कांकणां घेवपी फारीक



करिनासले, म्हणटकीर कांकणकाराक व्हड जतनायेन कांकणां घालची पडटालीं. कांकणां घालून जातकीर वळाराक पांयां पडपाची चाल आसली, व्हंकलेक चुडो भरले उप्रांत कांकणांच्या पयशां वांगडाच तांदूळ, नाल्ल, विडो, वस्त्र दक्षणां व्हंकलेकाराकडसून कांकणकाराक दिवन ताचो भोवमान करपाची सामाजीक रीत आसली.

आदल्या काळांतले गांवगिरें जिणेंत घराघरांत पावपी आनी बायलांच्या हातांत कांकणां चडोवपी वळोराची एक खाशेली सुवात आसली. विशेश करून लग्नावेळार व्हंकलेक चुडो आनी यजमान्न धरून लग्नघरांतल्या हेर बायलांक खाशेलीं कांकणां घालपाचे घरगुती कार्यावळींत वळार मध्यवर्ती सुवातेर आसतालो. हाकाच लागून लोक साहित्यांत, तशें अभिजीत साहित्यांत वळाराचो उल्लेख जाला.

धालो – गीत :

१. कांकणकारा – वळेरा
तुजी बायल गेली कुळारा
वचुंनी तिका, वचुंनी तिका,
तांबडी साडी न्हेसुंनी तिका
तांबडी साडी न्हेसुंनी तिका

२. घिशी – मिशी
कांकणां घाल रे वळारा
ते बायलेचो घोव ना घरा
कांकणां फुटलीं पंदरा – सोळा
घिशी मिशी कांकणां घाल रे वळारा

पांयांनी दारोदार

भोंवपी वळार आतां दिसना. उप्रांत स्कुटरिचेर भोवपी वळार आयले. आतां तेय दिसना. आतां कांकणांची बाजारांत दुकानां आसात. लोक दुकानांत वचून कांकणां घेतात आनी आपले आपुणूच घालतात. सदच्या वेव्हारांत कांकणां ना घालपाची सद्याची फॅशन आशिल्ल्यान, प्रसंगाचेरच कांकणां घालप जाता आशिल्ल्यान, कांकणकार (वळार) ह्या वेवसायिकाचें अस्तित्व इतिहास जमा जायत रावला.

वळाराचे जिणेचेर आदारीत 'ओ बाय' ह्या एका कोंकणी टेलिफिल्मची निर्मिती जाल्या.

– सं. मं.

कांगां : पळयात : गुरफळें

कांजी : पळयात : पेज

कांटमूय : पळयत : मूंय

कांटे कणंग : पळयात : कणंग

कांटेकुंवर : (मराठी : कोरफड, हिंदी : घी. कुंवार, गुजराती : कडवी – न्हानीकुंवर, कन्नड : लोळिसर, संस्कृत : इक्षुर्मल्लिका, इंग्लीश : इंडियन ॲलो, लॅटीन : ॲलोवेरा)

एक वखदी वनस्पत. सुमार ४५ ते ६० सें. मी.

उंचायेची वनस्पत. उश्ण हवा, सुकी जमीन, दर्यादिगे सुवार्तिंनीं ही वनस्पत जाता. हाची पानां मांसाळ. सुमार ६ ते १० सें.मी. रूंद आनी तोंकामेरेन बारीक जायत वता. एकाआड एक पानां, मुळापसून भायर सरल्या अशी दिसपी, बीन देंठाची, भाल्यासारखीं दिसपी पानां. ह्या पानांक ल्हान कांटे आसतात. लेव पाचव्या पानांचेर धव्या तिब्यांच्यो रेगो आसतात. ह्या सगळ्या पानांचो एक चोमों जाता आनी तातुंतल्यान ऑगस्ट – डिसेंबर म्हयन्यांत हळडुव्या, केसरी रंगाचें लांब अशें सोबीत फूल भायर सरता.

कांटेकुंवराच्यो खुबशो जाती आसात. कांटेकुंवर पोरसांत सोबितिकरणाखातीर लायतात. उद्यानांत आनी घरांतल्या कुंड्यांनी तीं लायतात. थंडी जाल्यार तशेंच गोडेमूत, यकृत, श्वासनलिका आदी विकारांचेर ह्या पानांचो रोस उपेगी थारता. वखदी उपेग करताना जाणकाराकडसून मार्गदर्शन घेवचें.

– सं. मं.

कांदळ (बाळो) : (मराठी : कांदळ (खारफुटी), कन्नड : कांदले, इंग्लीश : ट्रु. मॅनग्रोव्ह, लॅटीन : ऱ्हायझोफोरा मक्रोनेटा)

कांदळ ही एक ल्हान वनस्पत. दर्यादिगे लागसार आशिल्ल्या सुवार्तिनी ही वनस्पत सापडटा. हे वनस्पत उंचाय ४.५ – ७.५ मी आसा. हार्ची पानां सार्दी, एकामेकासामकार, मात्शीं व्हड, पाचव्या रंगाची चकचकीत, तशींच पोंदांतल्यान पानां फिकट रंगाची आसा. पानांच्या तेंगशेवयल्या भागाक बारीक कांटेय आसता. ह्या झाडाच्या खोडाक



खूब आदारमुळां आसता, आनी हीं आधारमुळां दलदलीवयर आशिल्ल्या खोडाच्या भागाकसाकून सुरू जावन दलदलींत रिगता. तातुंतल्यान ते ह्या झाडाक २.५–५ सें. मी. फळांय लागता. लांब, गाड – पिंगशीं, लोंबकळपी आनी तातुंतल्यान भायर दिसपी आदिमूळ (बाळो) आसता. तेभायर ह्या झाडाक हळडुव्या रंगाची तुऱ्यासारकीं फुलां ऑगस्ट – डिसेंबर मेरेन फुलता. हीं फुलां ल्हान नाजूक अशीं चार पाकळ्यांची आसता. जेन्ना फळ आदीमुळां सयत जमनीर पडटा तेन्ना थंय ते किल्लून येता आनी आपशींच झाड वाडटा. कोंकण भारतांत मुंबय, तामिळनाडू, अंदमान आनी बंगाल सारक्या दर्यादिग सुवार्तीनी ही वनस्पत सापडटा. तशेंच पाश्चात्य देशांनी जशें श्रीलंका, सिंध, मल्लाक्का ते भायर आफ्रिका आनी ऑस्ट्रेलिया ह्या सुवातिनीय ही वनस्पत सापडटा.

जळोव म्हूण ह्या झाडाच्या लाकडाचो उपेग करतात. तशेंच किरकोळ उपेग म्हूण आनी घर बांदकाम करपाच्या कामांतूय ह्या झाडाच्या लाकडाचो उपेग जाता. गोडेमूत दुयेंसांचेर नियंत्रण हाडपाखातीर ह्या झाडाच्या सालिचो उपेग करूं येता. पर्यावरण शुद्ध राखपाक हे वनस्पतिचो खूप फायदो जाता आशिल्ल्यान हे वनस्पतिचो मोठ्या प्रमाणांत लागवड करपाची येवजण सरकारान आखल्या. ते प्रमाण दर्यादिगेवयल्या वाठारांत, दर्यादिगेक तेंकून हे वनस्पतिची कृत्रीम रितीन व्हड प्रमाणांत लागवड केल्या. ही वनस्पत कापपाक, हुमटावपाक वा हेर तरेन नश्ट करपाक कायद्यान बंदी आसा.

– सं. मं.

कांदो : (मराठी : कांदा, हिंदी : पियाज, गुजराती : डुंगली, कन्नड : उळ्ळेगड्डी, संस्कृत : कंदर्प, इंग्लीश : ऑनियन, लॅटीन : ऑलियम केपा)

एक कंद वनस्पत. जमनींत कंदासारखी जावपी ल्हान वखदी वनस्पत. कांद्याच्या पानांचो (पातींचो) जमनींत भितर उरिल्लो भाग पळोवपाक एकाद्रे फळ कशें दिसपी, ह्या भागाकूच खऱ्या अर्थान 'कांदो' अशें म्हणटात. ह्या भागांत कांद्याचो रोंपो आपलें अन्न सांठोवन दवरता. हो भाग तांबसर – गुलाबी रंगाचो आसता. ह्या भागा भितर कांद्याचो पाकळ्यो एकमेकांका गुटालायिल्लो आसतात. ह्योच पाकळ्यो मागीर स्वतंत्र रूपान वयर सरतात. तार्चीं पाळां मोटवीं तशेंच केंसाळ (Fibrous) आसतात. हीं पाळां धवसर आसून चड खोल वचनात. कांद्याचें कांड जमनींत उरता

जाल्यार चडसो भाग जमनीवयर आसता. जमनिवेलो भाग पाचवो नळयेच्या आकाराचो आसता. ह्या वयर आयिल्ल्या पानांक 'पात' म्हणटात. ही पात पोकळ आनी तोंकार बारीक आसता. ह्या बारीक तोळांचेर फुलांचे बोंड येता. फुलांचो कोर धवसर – पोपटी आसता. ह्या फुलांपसून बारीक बारीक काळ्यो बियो तयार जातात. ह्या बियांपसून कांद्याची लागवड करतात. कांदो मर्दी फुगीर आनी दोनूय तोंकांनी शीर आसता. पातयेकडलें तोंक, कांडाकडल्या तोंकाच्या मानान चड बारीक आसता. कांद्यांत अमोनिया खूब आसता, म्हण तो कापतकच एकतरेचो वास येता. ताच्या मिरमिरसाणेक लागुनूच दोळ्यांतल्यान दुकां येतात. कांदो दोन तरांचे आसतात. धवे आनी तांबडे (तांबसार – गुलाबी). धवे कांदे कमी रूचिचे आनी कमी तीख आसतात. जाल्यार तांबडे कांदे चड रूचिचे आनी चड तीख आसतात.

कांदो रोवपाच्यो दोन पद्धती आसात. एक बीं घालून, दुसरो कांदो घालून. कांद्याची पीक काडपाची खाशेली पद्धत आसा. जमीन निवळ करून खणप, दिखळे फोडून माती बारीक करप. मातयेच्यो १X२ मी. अश्यो बांदयो तयार करप आनी तातूंत बीं घालप. बीं घाल्ल्यो बांद्यो उपरांत तणान धांपप. तणान धांपतकच दोन फायदे जातात. पयलो उदक बियांचेर पडून बीं उसळनात आनी कोंब मोडनात. दुसरो, वातावरण गरम उरता आनी कोंब येवपाक आदार दिता. तेचपरी कोंब तणांतल्यान वयर येता म्हणसर कांय दीस वतात. बीं घाल्ल्या बांद्यांचेर दिसपट्टें उदक शिंपडावचें पडटा. आठ दिसांनी बियांक कोंब येतात. कोंब तणांतल्यान वयर दिसूंक लागले म्हणटकच तण काडून उडयतात. सादारणशे स ते आठ इंच उंचायेचे रोंपे जातकच ते हुमटावन दुसरेकडेन रोयतात. ह्या रोप्यांक 'पात' म्हणटात.

पात रोयल्या उपरांत कांय दीस सांज – सकाळ आनी उपरांत दिसाक एक वेळ शिंपपाची गरज आसता. सादारणशें तिसऱ्या म्हयन्यांत, म्हळ्यार पातीचीं (जमनिवयल्या भागाचीं) तोंकां सुकूंक लागलीं म्हणटकच शिंपणे बंद करपाक जाय. ह्या वेळार भितल्ल्या कांद्यांत आकार घेतिल्लो नासता. कांद्याची पात पुराय सुकता म्हणसर जमनिंतलो भाग बरो फुगता आनी कांदो तयार जाता. तयार जाल्लो कांदो थोडेदीस जमनींत तसोच सांडपाचो आसता, उपरांत तो हुमटावन वा खणून काडटात.

कांदो तयार जावपाक कमीत कमी १२० दीस लागतात. हो कांदो कांयकडेन पातीसकट सांठयतात. हुमटायल्ली कांदो थोडे दीस थंयच पातळशी रास मारून सुकपाखातीर दवरतात. पाती सकट कांदे सांठोवपाची एक खाशेली पद्धत आसा. खूब कांदे एकठांय घेवन तांची पात एकामेकांत घुस्पावन विणी घालतात आनी अशेतरेन कांद्याच्यो चुडयो करतात. दोन चुडयांच्यो विणयो एकमेकांक बांदून त्यो वयर दांडयेर हुमकळायतात. अशो चुडयो बांदिल्लो कांदो चड तेंप तिगता. अर्दी अशेतरेन दांडयेर हुमकळयल्ले

कांदे घराघरांनी दिश्टी पडटाले. आतां खूब कमी प्रमाणांत पळोवंक मेळटा. शारांनी सोडले जाल्यार कांय गावगिऱ्या वाठारांनी अशेतरेन हुमकळयल्ले कांदे दिश्टी पडटा. हालिंसारा कांद्याच्यो बांदिल्ल्यो चुडयो बाजारांत मेळटात. पूण त्यो चड तेप तिगपाखातीर घरा हाडून तांतले कुशिल्ले कांदे आनी सुटिल्ल्यो साली कडेक काडून आनी सुकिल्ल्या तणाच्या आदारान विणयो परत्यो घालच्यो पडटात.

कांदो रोवन पीक काडपाचीय पद्धत आसा, ती अशी : कोंब आयिल्ले कांदे रोप, ते वाडोवप, वेवस्थीत सारें – उदक जालें म्हणटकच तांकां फुलां येतात. हीं फुलां धवसार रंगाचीं आसतात. तांका बियां जातात. बियां पुराय तयार जालीं म्हणटकच तांचो रंग काळो जाता. हीं बियां काडून सुकोवन दवरतात.



कांद्याच्यो मोवळ्यो बांदताना.

आनी उपरांत बीं रोयतात. बीं रोवन लागवड केल्ल्या कांद्याचे पातीक फुलां येनात, फकत कोंबेल्ले कांदे रोवन जी लागवड करतात, ताचें पातीक फुलां येतात, आनी तांचेपसून बीं मेळटा. बीं काडल्या उपरांत पोंदचो कांदो काडटात. हो कांदे रूचीक कमी आसता.

कांद्याचे पातीक जायत्या तरांचो रोग आनी किडी लागतात. Pseudoumia Sicatp नांवाच्या चित्यापसून कांद्याचे पातीक रोग लागता. पातीचेर बारीक बारीक गोबरा कोराचे दाग पडटात. ह्या रोगाक आळाबंदा हाडपाक कांद्याची बरी जात लायतात. तेचपरी बियांक 'थायरन' वा 'कोप्टान' ह्या सारकीं वखदां चोळून मागीर बी किल्लत घालतात. तशेंच कांद्याच्या शेतांत हो रोग दिसल्यार 'बाव्हीस्टीन वा केलीकसीत' सारक्या वखदांचो फवारो मारतात. स्मूट (Smut) नांवाचो आनी एक रोग कांद्याक जाता. हो रोग जाल्यार कांद्याची पात वाडना, म्हणजे आपशींच भितल्ल्या कांद्याचे वाडिचेर परिणाम जाता. योग्य बीं वापरून आनी बियांक वखद लावन हो रोग पयस करतात. कांद्याक थ्रिप्स (Thrips) नांवाची किमसांभशेन बारीक दिसपी कीड लागता. ती पातिंतलो रोस खाता, ताका लागून पात मुड्डता आनी वांकडी जाता. चडकरून गिमांत ही कीड लागता. हे किडीक ना करपाखातीर वीस – वीस दिसांनी 'मोनोप्लोटोफॉस' वा 'डायमेथोएट' हीं वखदां फवारचीं. 'नाइट' नांवाची किडूय कांद्याक लागता, पूण तिचेंपसून चड लुकसाण जायना.

कांदो तीख जरी आसलो, जाल्यार कांद्याचो उपेग खूप कडेन जाता. खाणां – जेवणांत हाचो उपेग जाताच. कांद्याचो वखदी उपेगय जाता कांद्याची पात आनी कांदो अशा दोन तरांनी कांद्याचो वापर केला. जेवणांवेळार, भाजयेंत, रोसांत, हुमणांत (नुस्तें पळोवन), सालादांत, चिकनांत, तसोच हेर जिनसांनी कांद्याचो वापर करतात. पुलावांत कांद्यांची पात वापरतात. वखदाखातीर कांद्याचो उपेग खूब तरेन जाता. कातीचेर जावपी जायत्या पिंडाचेर कांद्याचो

वापर जाता. फोड येवप, गोळ जावप, कॉर जावप हाचेर भाजिल्लो कांदे (Poultice) वापरतात. कान दुखप आनी दोळ्यांचे पिडेखातीर कांद्याचो रोस उपेगाक पडटा. ल्हान भुरग्यांक जाल्ली थंडी आनी खोंकली निवळावपाक कांद्याच्या रोसाचो उपेग जाता. कांदो खाल्यार भूक वाडटा आनी मुतूंक साफ जाता. तेभायर कामीण, पीत्त, कफ, अजीर्ण, अमांश, पटकी, घुंवळ, मोंडणें ह्या पिडांचेरय उपाय म्हूण कांद्याचो वापर करतात. बायलांची मासीक पाळी सुरू करपाकूय कांद्याचो उपेग जाता. गोडेंमूत जाल्ल्या वायटकाराक दिसाक ५० ग्राम ह्या हिसपान कांद्याचो वापर केल्यार 'इन्सुलीन' ह्या द्रव्याचो वापर ४० युनिटांवेल्या २० युनिट दर दिसा कमी जाता. घुंवळ येवन बेशुद्ध पडिल्ल्या मनशाक शुद्धीर हाडपाक कांदो चेचोवन ताच्या नाकामुखार धरता. पयलीं सबंद गोंयांत, मयडें हो गांव. कांद्याचे बीं पावयतालो. आतां भायलें तयार बीं लोक वापरतात.

शास्त्रीय नदरेन कांद्याचो जरी भाजीपाल्यांत आस्पाव जाता आसलो, तरी लोक देवकार्याच्या जेवणांत कांद्याचो वापर करिनात. देख दिवची जाल्यार सत्य नारायणाची पुजा आसल्यार तयार केल्ल्या खंयच्याच जिनसांनी चुकून लेगीत कांदो घालिनात. हाचें फाटल्यान एक समजूत आसा ती अशी : आदल्या काळांत कांद्याचे पीक बरें येवचें म्हणून धुकराच्या लेंडयांचें (विश्टा) सारें वापरतालें. ह्या कारणाक लागून धार्मीक कार्यांतल्या जेवणांत कांद्याक वर्ज्य मानताले.

– सं. मं.

कांबळ : पळयात : खोळ

काकय : ऊशिच्या रोसापासून केल्लो एक पातळ गोड पदार्थ. ऊशिचो रोस शिजोवन ऊशिचें गॉड तयार करता. गॉड तयार करपाचे प्रक्रियेचे सुर्वेक, म्हणजे ऊशिचो रोस शिजयताना, चड दाट जावचें पयलीं, पातळ आसताना रोस काडून घेता, त्या रोसाक काकय म्हणटा. हो पातळ गोड पदार्थ रूचीक आसता. तो निखटो खाता वा चपाती, भाकरी, पोळो वा पावाक लावनय खाता. काकायेक आनीक रूच हाडपाखातीर कांयजाण तातूंत वेळच्यांचो पिठो घालता.

– सं. मं.

काकोडकार, अनिल पुरुषोत्तम : (जल्म ११ नोव्हेंबर १९४३ बार्दवानी, मध्यप्रदेश)



आंतरराष्ट्रीय किर्तीचो गोंयकार अणु वैज्ञानीक गोंयच्या राजकारणांत आनी समाजकारणांत खाशेलें योगदान दिल्लो गांधीवादी पुरुषोत्तम (भाऊ) केशव काकोडकर हो ताचो बापूय आनी महात्मा गांधीच्या सेवाग्राम आश्रमांत काम केल्ली सेवाव्रती कमला ही

ताची आवय.

मध्यप्रदेशांत शालेय शिक्षण जाले उप्रांत ताणें मुंबयत पदवीमेरेनचे शिक्षण घेतलें. मुंबयच्या व्हिक्टोरिया ज्युबिली टेक्नीकल इन्स्टीट्युटांतल्यान ताणें १९६३ त मॅकानिकल इंजिनियरींगची पदवी घेतली. पदवी घेतले उप्रांत १९६४ त तो 'भाभा ॲटोमीक रिसर्च सेंटर' हे नामनेचे अणु संशोधन संस्थेंत काम करूंक लागलो. फुडें १९९६ त तो हेच संस्थेचो संचालक जालो. भाभा अणु संशोधन केंद्रांत आसताना ताणें, नोट्टीघाम युनीव्हर्सिटिंतल्यान, १९६९ त 'एक्स्प्रीमेंटल स्ट्रेस ॲनालायसीस' विशयांत पदव्युत्तर पदवी घेतली. ताची भारत सरकारच्या अणु उर्जा आयोगाच्या अध्यक्षपदार – नेमणूक जाली आनी तांच्या यशस्वी कामगिरीखातीर ही नेमणुकेचो फुडें तिनदा कार्यकाळ वाडयलो. उप्रांत – वर्सा तो ह्या पदावयल्यान निवृत्त जालो. 'नॅशनल अकादमी ऑफ इंजिनियरींग', 'इन्स्टीटयूट ऑफ इंजिनियर्स' 'इंटरनॅशनल ॲटोमीक एनर्जी, एजन्सी', 'न्युक्लीयर सेफ्टी स्टँडर्ड' अशा साबार राश्ट्रीय आंतर राश्ट्रीय अणुशास्त्र संबंधीत संस्थांकडेन ताचो लागिंचो संबंध आसलो.

वेगवेगळ्यो यांत्रिकी रचना, तातुंतली सुधारणा, तशेंच अणु-भट्टी सुरक्षा अशा विशयांतल्या संशोधनांत ताचो वाटो व्हड आसा. यांत्रिकी शास्त्राचो वापर करून ताणें तयार केल्ल्या वेगवेगळ्या अद्ययावत यांत्रिकी उपकरणांचो, भारतांतल्या वीज उत्पादन करपी अणु भट्ट्यांनी उपेग जाता. ''चॉपर टेक्नॉलॉजी''चो वापर करून मुंबयच्या महानगरांतल्या रेलगाड्यांक लागपी विद्युत प्रवाहाची बचत करपाची मांडणी करून, वीज इंधनाचो अवांतर वापर उणो केलो. पोखरण अणुस्फोट चाचणी १ आनी २ तली ताची कामगिरी तोखणायेची जाली.

ह्या मळावयले काकोडकार हाचें देखदेणे कार्य म्हणजे भारत – अमेरिका नागरी अणुकराराची यशस्वी सांगता. ह्या करारावरवीं देश हिताक बाधा हाडी नासताना, भारताक अणुउर्जेच्या क्षेत्रांत स्वावलंबन तशें देशाच्या विकासाखातीर अणु ऊर्जेच्या वापराचें, देशाक स्वातंत्र्य असो दोट्टी फायदो करून घेवपांत हेर विज्ञानिकांवांगडा काकोडकार हाचें व्हड योगदान आसा. अणुऊर्जा हिचो वापर ह्या मळार वर्चस्व गाजोवपाक न्ही, तर तिची देशाखातीरआसली गरज भागोवपाक आनी प्रसंग पडल्यार, देशाच्या दुस्मानाक भंय घालपाक अशे ऊर्जेची गरज आसा, अशे ताचें मत आसा. ह्या कराराक देशांत तसो देशाभायर खर विरोध जाल्लो आसुनूय, अशे परिस्थितिंतल्यान यशस्विपणान करार पुराय करपाक काकोडकार हांची बुद्धीमत्ता तशी प्रशासन कुशळकाय उपेगी पडली.

'विक्रम साराभाई पुरस्कार' (१९८८), 'मटेरियल सायन्स पुरस्कार' (१९७७), 'एच. के. फिरोदिय पुरस्कार' (१९९६), 'शॅकवेल पदक', 'हॉल ऑफ फेम', अशे राश्ट्रीय आनी आंतर राश्ट्रीय पुरस्कार ताका फाव जाल्यात. गोंय सरकाराचो 'गोमन्तक विभुषण' हो सगळ्यांत व्हडलो पयलो नागरी पुरस्कार ताका प्राप्त जाला (२०१०) भारत सरकाराचे पद्मश्री किताब ताका फाव जाला.

– सं. मं.

काकोडकार, चंद्रकांत कल्याणदास : (जल्म : २१ मार्च १९२१ काकोडे – केपें, गोंय; मरण : २३ नोव्हेंबर १९८८, मुंबय)

नामनेचो मराठी कादंबरीकार आनी रहस्य कथा लेखक काकोडकाराचे मुळावे शिक्षण काकोड्या वाठारांत जालें. फुडलें शिक्षण घेवपाखातीर मुंबयत

आशिल्ल्या ओरिएंट आनी चिकित्स समूह शाळांनी शिकप घेवन १९४३ वर्सां तो मॅट्रीक जालो. भुरगेंपणापासून ताका वाचनाची गोडी आशिल्ल्यान सानेगुरूजी, खांडेकार, फडके हांचे साहित्य वाचून काडले. बंगाली लेखक चटर्जींच्या साहित्याचो ताचेर चड प्रभाव जाल्लो दिसता.

पिरायेच्या १७ व्या वर्सा ताणें कादंबऱ्यो बरोवंक सुरवात केली, तेन्ना तो मॅट्रिकेच्या वर्गांत शिकतालो. ताणे 'चंद्रकांत' नांवाचो आनी 'काकोडकार' नांवाचो वर्सुकी दिवाळी अंक काडिल्लो. तातूंत ताच्यो ४-५ अश्यो कादंबऱ्यो आसताल्यो. (१९४४) तली 'निसर्गाकडे', 'कुणाच्या स्वातंत्र्यासाठी' आनी 'गोमंतका जागा हो' ह्यो तांच्यो सुरवातिच्यो तीन कादंबऱ्यांनी साहित्यांत ताचें स्वताचे स्थान निर्माण केलें.

शरच्छंद्र चटर्जींच्या कादंबऱ्यांच्या वाचनान बंगाली जिणेचो प्रभाव ताच्या कादंबरींतल्यान दिसून येता. ह्याच प्रभावाक लागून 'सुचिता' ही बंगाली कादंबरी बरोवन ती ताणें शरतचंद्राचे भाशांतर म्हण प्रसिद्ध केली आनी आपले नांव अणकारपी म्हण घाले. हो अणकार खुपूच बरो जालो अशें जाणकाराचें मत आसा.

बंगाली जिवाताचे फांटभुंयेवयल्यो मुखावेल्यो सगळ्यो कादंबऱ्यो काकोडकारांची स्वतंत्र निर्मिती आसा.

गोंय सुटकेच्या १५-२० वर्सां आदी, काकोडकारान, गोंयाक सुटका मेळचेखातीर सशस्त्र झूज दिवचें पडटलें, असो विचार मांडिल्लो. आनी त्याच काळांत, गोंयचे सुटके चळवळिचेर 'गोमंतका जागा हो' ही कादंबरी बरयली. मनीस परिस्थितीक लागून गुन्यांवकारी जाता, अशा विशयासंबंदीत ताणें 'अग्निदित्य' ही कादंबरी बरयल्या. हेंच कादंबरीवेल्यान 'धाकटी बहीण' हो मराठी बोलपट निर्माण जालो. तेच तरेन, 'अशी तुझी प्रीत' ह्या कादंबरीवेल्यान 'मैं तुलसी तेरे आंगनकी' हो हिंदी चित्रपट तयार जालो. सर्वोत्कृष्ट फिल्म म्हण फिल्म फेअर अवॉर्ड ह्या बोलपटाक दिलो, तशेंच लेखकाकय ॲवॉर्ड मेळलो ताच्या 'प्रतिशठा' ह्या कादंबरीवेल्यान हिंदी चित्रपट आनी 'आसावरी' ह्या कादंबरीच्या आदारान तेलगू चित्रपटय आयलो.

अगाथा ख्रिस्ती आनी पेरी मॅसनचें निर्माते अर्ल स्टॅन्ले गार्डनर हांच्या रहस्य कथांचें अणकार म्हण काकोडकारान रहस्यकथा बरयल्यो.

१९६० वर्सा उपरांत ताणें 'प्रेम आनी शृंगार' ह्या विशयावेल्यो कितल्योश्योच कादंबरी बरयल्यो. १९६३ वर्सां दीनानाथ पै हाच्या 'रंभा' ह्या नेमाळ्यांत काकोडकाराची 'श्यामा' ही कादंबरी उजवाडाक आयली. ही कादंबरी अश्लील, असो आरोप कांय जाणांनी ताचेर केल्लो, हो वाद सुप्रिम कोर्टा मेरेन पावलो. पूण निमाणें थंय काकोडकाराक जैत मेळून तो आरोप मुक्त जालो. ताणें सुमार ३०० कादंबऱ्यो बरोवन व्हड नामना मेळयली.

गोमंतक मराठी साहित्य संमेलनाच्या कुडचडें - सावर्डे हांगा जाल्ल्या १९ व्या अधिवेशनाचो तो स्वागताध्यक्ष आसलो.

गोमंतक मराठी साहित्य संमेलनाचें दुसरें इनाम 'कीर्त मंदिर' हे कादंबरीक मेळलां, तर 'गर्जा जयजयकार' ह्या कादंबरीक १९५६ तले गोमंतक मराठी साहित्य संमेलनाचें भांगरापदक प्राप्त जालां. ह्या कादंबरीचो अणकार रशियन भाशेंत जाला.

- सं. मं.

काकोडकर, दिवाकर बाळकृष्ण : (जल्म : २९ सप्टेंबर १९१८, काकोडें – केपें)

गोंयचो सुटके झुजारी. ताणें मॅट्रिक मेरेन शिक्षण घेतलें. १९३५ वर्सा तो भारतीय कम्युनिस्ट पक्षाचो वांगडी जालो. मुंबय आसतना ताणें भारताच्या सुटके झुजात वांटो घेतिल्लो. मुंबयच्या विद्यार्थी संघटनेचो तो कार्यशील वांगडी आसलो. मुंबयच्या 'गोंय युथ लिग' संघटनेचो तो वांगडी आसलो. तशेंच 'गोंयकारांचो पक्ष' (Goans people's party) संघटनेचो तो एक संस्थापक वांगडी आसलो. कुडचडें वाठारांत विद्यालयांत शिक्षक आसतना, १६ सप्टेंबर १९४९ दिसा पोलिसांनी दिनकर कृष्णा काकोडकार हांच्या वांगडा तांकां राष्ट्रवादी कार्यांत भाग घेता, ह्या आरोपाखाल धरलो. चवकशी करी नासतना वीस म्हयने ताका आग्वाद बंदखणींत दवरलो. उपरांत एप्रील १९५१ त, ताका आफ्रिकेंत अस्तंत दर्या देगेवेल्या, 'काबो व्हेर्दे' हांगा अटलांटिक म्हासागरांतल्या 'देंवचाराचो जुंवो' (Devil's Island) हांगा बंदखणींत दवरलो. थंय ताणे सात वर्सां बंदखण भोगली. १९५८ वर्सा बंदखणिंतल्यान ताची सुटका जाली. थंय सांवन २० एप्रील १९५८ दिसा तो लंडन मार्गान भारतांत (मुंबय) आयलो. तेन्ना 'गोंयकारांचो पक्ष' ही संघटनेचे दोन पंगड जाल्ले. जून १९५८ वर्सा ह्या दोनूय पंगडांक ताणें एकठांय हाडले. तेन्ना ह्या नव्या पक्षाचो चिटणीस म्हूण ताका वेंचून काडलो.

ताणें 'आझाद गोमंतक दल', 'नॅशनल कॉंग्रेस, गोंय' आनी 'गोंयकारांचो पक्ष' ह्या तिनूय संघटनांक एकठांय हाडपाचो अपेशी यत्न केल्लो. फुडें मुंबय २ ते ४ ऑक्टोबर १९५९ त भरिल्ल्या गोंयच्या राजकी अधिवेशनांत निमंत्रक समितिचो चिटणीस म्हूण ताणें मुखेल वांटो घेतिल्लो. गोंय सुटके उपरांत भारतीय कम्युनिस्ट पक्षाचे गोंय राज्य संघटनेचो तो चिटणीस आशिल्लो. हे संघटनेन घडोवन हाडिल्ल्या चळवळिंनी, कार्यांनी आनी कामगार चळवळींत ताणें तळमळीन वावर केला. १९६८ वर्सा कुडचडें वाठारांतल्या गांवकऱ्यांनी ताचो सत्कार केलो. १८ जून १९८१ दिसा गोंय सरकारान ताच्या सुटके झुजांतल्या वावराचो भोवमान केलो.

– सं. मं.

काकोडकार, पुरुषोत्तम केशव : (जल्म १८ मे १९१३ काकोडें गोंय, मरण : नवी दिल्ली)

एक सुटके झुजारी आनी राजकीय फुडारी. ताचें आवयचें नांव सगुणाबाय आनी बापायचें केशव.

ताचो बापूय भाटकार आसलो.

ताचें मराठींतल्यान मुळावें शिक्षण जाल्या उप्रांत ताणें फोंडेच्या आल्मेदा कुलेजिंतल्यान लिसेंवाचें पुर्तुगीज शिक्षण घेतलें. उप्रांत बनारसाक वचून थंयच्या 'क्वीन्स कॉलेज' ह्या सरकारी संस्कृत कॉलेजींत

संस्कृत भाशेचो अभ्यास करून 'शास्त्री' ही पदवी जोडली. कोंकणी, मराठी, हिन्दी, संस्कृत, पुर्तुगीज आनी इंग्लीश भासो ताका अवगत आसल्यो.

१९४१-४२ ह्या काळांत ताणें महात्मा गांधीन स्थापन केल्ल्या "ऑल इंडिया स्पिनर्स असोसिएशन" च्या खादी प्रचार चळवळिचो सुमार १८ म्हयने वावर केलो. ताणें स्वता जल्मभर खादीबगर दुसरें कसलें वस्त्र आंगार घातलें ना. १९४२ वर्सां जाल्ल्या 'भारत छोडो' चळवळींत ताणें वांटो घेतिल्ल्यान पोलिसांनी ताका अटक करून बेळगांवां सेंट्रल बंदखणींत घालो. बंदखणिंतली ख्यास्त भोगले उप्रांत १९४३-४९ ह्या काळांत ताणें भुंयगत जावन भारताचे सुटके चळवळिचो वावर केलो.

गोंयांत येवन ताणें डॉ. विनायक मयेकार, एव्हाग्रियू जॉर्ज, वसंत कारो, निकुबाब कारापुरकार, प्रमिलाताई जांबावलीकार, मुक्ता कारापूरकार हांच्या आदारान 'गोवा सेवा संघ' ही संघटना स्थापन केली ह्याच काळांत डॉ. राम मनोहर लोहिया गोंयांत आयलो. ताणें १८ जून १९४६ दिसा गोंयांत, गोंयचे सुटकेखातीर पुर्तुगीज सत्तेआड आंदोलन सुरू केलो. ह्या आंदोलनांत श्री.काकोडकार हाणें सक्रीय वांटो घेतिल्लो. डॉ. लोहियाक अटक जातकच काकोडकार हाणें, डॉ. लोहियान सुरू केल्ली चळवळ मुखार व्हरूंक, फुडारपण केलें.

९ आगस्ट १९४६ दिसा पुर्तुगीज सरकारान काकोडकाराक अट केली. २७ सप्टेंबर १९४६ दिसा लश्करी कोर्टांत ताका णव वर्सांची हद्दपार आनी बंदखणिची ख्यास जाली. पुर्तुगालांतल्या पेनिश किल्ल्यांत बंदखणिची आनी लिस्बनांत नदर कैदेची ख्यास्त भोगले उप्रांत आनी पुर्तुगालांत हद्दपारिची ख्यास्त भोगलेउपरांत १६ मे १९५६ दिसा काकोडकार भारतात आयलो आनी ताणें परत लोकांक संघटीत केले. १९५८ त ताका ४५ दिसांची बंदखण जाली आनी बंदखणिंतल्यान सुटले उप्रांत ताणें आनी ताच्या सांगात्यांनी वेगळो मार्ग आपणावपाचे थारायलें. पं. जवाहरलाल नेहरूंच्या पालवान ताणें पुर्तुगीज गव्हर्नादोराकडेन गोंयकारांक लोकशाय - हक्क मेळचे म्हणून उलोवणी सुरू केली. तशेंच पुर्तुगालाक वचून सालाझार सरकाराकडेन उलोवणी केली.

महात्मा गांधीच्या सेवाग्राम आश्रमांत काकोडकार आसलो तेन्ना त्याच आश्रमांत सेवा करपी कुमारी कमल हे सुटके झुजारणीकडेन तो लग्न जालो. ताका एक पूत आनी एक धूव आसा. भारतीय अणु संशोधन केंद्राचो माजी अध्यक्ष श्री. अनील काकोडकर हो ताचो पूत.

काकोडकार हाणें गांधी मार्गी राजकीय चळवळ आनी भौशीक हिताचे राजकारण प्रामाणीकपणान केलें. तशेंच ह्या दोनय मळार म्हत्त्वाच्या पदांचेर काम केलें. स्वतंत्र गोंयच्या पयल्या नायब राज्यपालाचे सल्लागार समितिचो वांगडी, गोंय, दमण आनी दीव प्रदेश काँग्रेस अस्थायी समितिचो निमंत्रक, आनी गोंय, दमण, दीव प्रदेश काँग्रेस समितिचो पयलो अध्यक्ष म्हण ताणें काम पळयलां. गोंयचे शेजारच्या राज्यांत विलिनीकरण जावंचें न्हय तर गोंयांक स्वतंत्र राजकीय अस्तित्व मेळचें म्हणून ताणें आपलें राजकीय वजन आनी वैयक्तीक बरेंपण वापरून गोंयांखातीर केंद्रीय सरकाराकडसून ओपिनियन पोल (सार्वमत) मंजूर करून घेवंक योगदान दिलां. १९७१ चे सार्वत्रीक वेंचणुकेंत उत्तर गोंय मतदार संघांतल्यान तो लोकसभेचेर वेंचून आयलो. १९७८-८० ह्या काळांत तो प्रदेश काँग्रेस (आय) समितीचो अध्यक्ष आसलो.

तेभायर ऑल इंडिया काँग्रेस (आय) कमिटिचो वांगडी आसलो. १९८५ त तो राज्यसभेचो नियुक्त वांगडी आसलो. ''ऑल इंडिया फ्रिडम फायटर्स ऑर्गनायझेशन'' चो सचिव आनी 'गोवा फ्रिडम फायटर्स असोसिएशन'चो अध्यक्ष म्हणून ताणे काम पळयलां. गोंय सरकाराची ''गोवा कोंकणी अकादमी'' ही संस्था स्थापना करपाखातीर ताणें खाशेले प्रयत्न केले आनी तो संस्थेचो संस्थापक अध्यक्ष आसलो. कोंकणी भाशेचो घटनेच्या आठव्या परिशिश्टांत आस्पाव करपाच्या वावरांत ताचें मोलादीक योगदान लाबलां.

– सं. मं.

काकोडकार, मीना : (२१ सप्टेंबर १९४४ पाळोळें – काणकोण – गोंय)

कोंकणी लेखिका. तिणें मुखेलपणान कथाप्रकार हाताळला. आदलें नांव मीना दुर्गा गायतोंडे आनी लग्ना उप्रांतचे मीना सुरेश काकोडकार. तिचें माध्यमिक शिकप पिपल्स हायस्कूल – पणजी आनी न्यू एरा हायस्कूल – मडगांव हांगा जालें. तिणें बी. एस. सी ही पदवी मुंबयच्या विल्सन कॉलेजींतल्यान घेतली. कथा लेखना वांगडाच एक नाट्य कलाकार म्हणुनूय तिणें कोंकणी माचयेक आपलें योगदान दिलां. तेभायर तिणें ''गोवा एनिमल वेल्फेअर ट्रस्ट''ची ट्रस्टी म्हणून मोनजातीखातीर सामाजीक वावर केला. गोंय सरकाराच्या लेखा (अकाऊन्टन्स) खात्यांत जॉईंट डायरेक्टर ह्या पदावयल्यान ती निवृत्त जाल्या.

तिचे ''दोंगर चंवरल्ला' (१९७२) आनी ''सपन फुलां'' (१९९०) हे दोन कथासंग्रह प्रसिद्ध जाल्या. तिच्यो कथा तंत्राचे नदरेन परिपूर्ण आनी आशयाचे नदरेन अर्थपूर्ण आसात. कथा बिजां ताकीवंत आनी नाविन्यपूर्ण अंतरमनाचो वेध घेवपी तिची सृजनशक्त तोखणायेची. 'सपन फुलां' ह्या कथा संग्रहाक १९९१ वर्साचो केंद्रीय साहित्य अकादमी पुरस्कार फाव जाला. तिणें भुरग्यांखातीर बालसाहित्यय बरयलां. 'साळकांतलो जादुगार', 'टिंग, टिंग टिटिंग' ''नाडपुरची नाडकथा' हीं नाटकुलीं तिणें बरयल्यात. तिच्या कथांचे साबार भारतीय भाशांनी अनुवाद

जाल्यांत. कोंकणी रंग माचयेर एक कलाकार म्हणून तिचें योगदान व्हड आसा. हांगाय तिका साबार पुरस्कार फाव जाल्यात. गोंयचे रंगमाचयेक दिल्ल्या योगदानाखातीर, 'कला अकादमी – गोंय,' हे संस्थेन आपल्या रुप्याउत्सवी कोंकणी नाटक महोत्सवांत तिचो भोवमान केला.

कोंकणी भाशा मंडळ पुरस्कार (१९७८), गोवा कला अकादमी पुरस्कार (१९८०), कुळागार प्रकाशन पुरस्कार (१९९०), डॉ. टी. एम. ए. पै (मणिपाल) पुरस्कार (१९९२), कथा पुरस्कार (१९९३) आनी (२००३), गोंय सरकार यशोदामिनी पुरस्कार (२००२), गोंय राज्य पुरस्कार

(२००७) हे तिका मेळिल्ले आनीक पुरस्कार आसात.

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या, अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलनाच्या, सदाशीवगड-कर्नाटक हांगा, २०११ त आयोजीत जाल्ल्या, विसाव्या अधिवेशनाची अध्यक्षा म्हणून तिची निवड जाली.

– महाबळेश्वर सैल

काकोडकार, शशीकला : (जल्म ७ जानेवारी १९३५, पेडणें – गोंय)

गोंयच्या राजकीय, आर्थीक आनी सामाजीक मळावयली एक धडाडिची बायल आनी गोंय राज्याची मुखेलमंत्री जाल्ली पयली बायल मनीस.

तिचें सुर्वेचें शिकप, मराठी, इंग्लीश आनी पुर्तुगीज भाशेंतल्यान गोंयांत जाले. तिणें धारवाडाक रावून कर्नाटक महाविद्यालयांतल्यान पदवी मेरनेचें (१९५८), आनी पदव्युत्तर (एम्. ए.) शिक्षण मुंबयच्या एल फिन्स्टन महाविद्यालयांतल्यान घेतलें.

गोंयचो पयलो मुखेलमंत्री दयानंद बांदोडकर आनी सुनंदा हांची ती धूव. गुरुदत्त काकोडकर हाचेंकडेन तिचें लग्न जालें.

स्वतंत्र गोंयांत महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षाचो अध्यक्ष आनी उप्रांत गोंयचो पयलो मुखेलमंत्री जावपाचो मान फाव जाल्लो दयानंद बांदोडकार, हाच्या सांगातान शशीकलेक घरच्या घरा राजकारणाचो सराव जाल्लो. बापायन केल्लें यशस्वी राजकारण आनी ते वरवीं केल्ली गोंयची सर्वांगी उदरगत ही समाजसेवेची आवड आशिल्ले शशीकलेक प्रेरणा थारली. हेच प्रेरणेन तिणें बापायच्या हाताखाला राजकारणांत प्रवेश केलो.

गोंय, दमण आनी दीवचे दुसरे विधानसभेंत (१९६७) तिसरे विधानसभेंत (१९७२) आनी चवथे विधानसभेंत (१९७७) ती सलगपणान महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षाचे तिकिटेर वेंचून आयली. ह्या काळांत तिणें शिक्षण, भलायकी, समाज कल्याण अशा

खात्यांचो कारभार सांबाळलो. फुडें मुखेलमंत्रीपदार आशिल्ल्या तिच्या बापायक १९७३ त मरण येतकीर, महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षान तिका मुखेलमंत्रीपद घेवपाची केल्ली विनंती मान्य करून ती गोंयची दुसरी मुखेलमंत्री आनी पयली बायलमनीस मुखेल मंत्री जाली. उप्रांतय १९७७ ते १९७९ कार्यकाळांत तिणें मुखेलमंत्रीपद सांबाळलें. फुडें गोंयांक घटक राज्य प्राप्त जातकीर १९८९ त जाल्ले वेंचणुकेंत वेंचून येवन युती सरकारांत (पी. डी. एफ.) तिणें शिक्षण, कला आनी संस्कृताय, येरादारी आनी नुस्तेमारी खात्यांचो कारभार पळयलो.

निमाणेकडेन १९९४ तले वेंचणुकेंत ती महाराष्ट्र वादी पक्षावतीन मये मतदार संघांतल्यान वेचून आयिल्ली ती तिची विधानसभेची वांगडी जावपाची निमणी संद थारली. उप्रांतच्या १९९९ आनी

२००२ च्या वेंचणुकेंत तिका यश ना आयिल्ल्यान आनी उप्रांत तिणें वेंचणुकेंत वांटो ना घेतिल्ल्यान ती विधानसभा तशी विधानसभे भायल्या सक्रीय राजकारणांत आदलेवरीं कार्यरत उरना.

तिचें सक्रीय राजकारणाचे वाटचालींत, नोंद घेवपासारख्यो दोन तीन घडणुको घडल्यो. तिणें महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्ष विसर्जीत करपाचो निर्णय घेतलो. भाऊसाहेब बांदोडकर गोमंतक (भा. बां. गो.) नांवाचो नवो पक्ष स्थापन केलो. कांय काळाखातीर तिणें काँग्रेस पक्षांत प्रवेश केलो. राजकारणांत जाल्ली उलथा-पालथ, सहकाऱ्यांकडेन जाल्ले मतभेद आनी काळाची गरज म्हणून हे निर्णय घेवप तिका प्राप्त जाले अशें जाणकारांचें मत आसा.

तिचें राजकीय कारकिर्दैंत, तिणें नोंद जावपा सारकें बरेंच योगदान दिलां. युनायटेड गोवन्स (युगो) ह्या पक्षाचें वर्चस्व आशिल्ल्या बाणावली मतदार संघांत महाराष्ट्रवादी पक्षाचो उमेदवार वेंचून हाडपाचें इतिहासीक कार्य केलां.

कुळकायद्यांतली पाचवी दुरुस्ती आनी कुळकायद्याची परिणामकारक कार्यवाही करपाक तिणें फुडाकार घेतलो. प्रादेशीक भाशांच्या कोंकणी, मराठी माध्यमांतल्या शाळांक अनुदान दिवपाचो तिणें निर्णय घेतलो. दयानंद बांदोडकारान सुरू केल्लो आनी गोंयच्या कला आनी सांस्कृतीक मळाचेर भुशण जाल्लो कला अकादमी प्रकल्प कार्यरत करपाक तिचें विशेश योगदान आसा. आर्थीक विकास महामंडळ, समाज कल्याण बोर्ड, गोवा कँसर सोसायटी, गोवा रेड क्रॉस सोसायटी, बांदोडकर शिक्षण संस्था आनी हेर संस्थांचे उदरगतीक तिचो हातभार लागला. गोंयच्या खण-उद्योगांत एक खण-उद्योजक म्हणून तिचें खाशेलें योगदान आसा. **– सं. मं.**

काकोळ : पळयात : कावळो

काज : (मराठी : काजू, हिंदी : काजू, गुजराती : काजू, कन्नड : गेरूबी, संस्कृत : काजुतक, इंग्लीश : कॅश्यूनट ट्री, लॅटीन : ॲनाकार्डियम ऑक्सिडेंटेल)

वर्सूयभर पाचवेंचार उरपी झाड. सुमार १२ मी. मेरेन उंचायेचे हें झाड. हाका जावपी पानां १०-२० सें. मी. लांबायेची वाडटा तर हे पानांची रूंदाय ५-१० सें. मी. काजीक फुलां फुलतात. तीं हळडुव्या रंगांची आसून फुलांक भितरल्यान गुलाबी रंगाचे पट्टे आसतात. हांकां 'चंवरा' अशें म्हणटात. काजूचें झाड आंब्या पणसांवरी उंच वाडून व्हडलो रूख जायना. ते झाड भरपूर वाडटा, पूण त्या झाडाक, सरभोंवतणी खांदेच - खांदे आनी ताळे फुटून, तें वाटकुळेंच पसवता आनी पाचव्या पानांनी गच्च भरून वता. ह्या पानांनी जीं पाचवीसाण आसता ती म्हळ्यार तातूंत आशिल्ल्या 'क्लोरोफील' नांवाच्या तत्वाक लागून. काजीक जीं फुलां फुलतात तीं दोन तरेंची आसतात. नर फुलां आनी नर - मादी फुलां (Hermophrodite) दर एका झाडाक नर फुलाचें प्रमाण नर - मादी फुलांपरस सदांच चड आसता. काजुच्या फळाक 'मुट्टो' अशें म्हणटात. हीं फळां चडकरून हळडुव्या, गुलाबी, तांबड्या - धव्या रंगाचीं आसतात. फळांचो रंग, आकार आनी वजन हें वेगवेगळ्या जातींनी वेगवेगळें आसता. दर एका फळाक भायर एक बी आसता. तरन्या कंवळ्या फळांक 'तुरमण' (तोट्टो) म्हणटात आनी ताच्याभायले तरने बियेक 'बीबो' अशें म्हणटात. फळ पिकतकच काजुची बी गोबरा कोराची जाता, ते बियेक 'फोक' अशें म्हणटात.

बियेचें वजन काजुचें जातीचेर आदारून आसता. बियेक भायल्यान घट्ट अशें कवच आसता. आनी ह्या कवचाभितर गर आसता, ताका 'म्होंवलो' वा 'गर' म्हणटात. काजुच्यो चड उत्पन्न दिवपी जाती विकसीत जाल्या. तातुंतल्यो वेंगुर्ला – १ आनी वेंगुर्ला – ४ ह्यो जाती बरे प्रतीच्यो आसात. हे जातीचीं कांय खाशेलपणां आसात. वेंगुर्ला – १ : १९७४ वर्सा अणसूर – १ हे जातीपसून निवड पद्धतीन ही जात विकसीत केल्या. हे जातीचे मुट्टे मध्यम आकाराचे आनी हळडुव्या रंगाचे आसतात.

वेंगुर्ला – ४ : १९८२ वर्सा मिदनापूरलाल आनी वेतोरे – ५६ ह्या जातींचो संकर करून ही जात विकसीत केल्या. हे जातीचे मुट्टे आकारान मोटे आनी रंगान गुलाबी आसतात. काजू हें विशुववृत्तावयल्या उशण आनी दमट हवामानांत वाडपी झाड. निबर आनी उदकाचो ताण सहन करपी हें झाड एकदम थंड आनी एकदम उशण हवामान करपाक शकना. ७५० मी. उंचायेचेर मेरेन काजुचीं झाडां बरीं वाडपाक शकतात. ह्या पिकाक रेंवट आनी देंवतेची, बरो निचरो आशिल्ली जमीन मानवता.



काजुची लागवड बियांपसून केल्यार चड उत्पन्न मेळटलें, हाची खात्री दिवंक जायना. पूण कलमा (गार्फां) पसून लागवड केल्यार चड उत्पन्न दिवपी जातीचे सगळे गूण त्या कलमांत येतात. तेखातीर काजुची लागवड चड करून अदीक उत्पन्न दिवपी काजुच्या झाडाचीं कलमां लावन करतात. काजुचीं कलमां कितल्याशाच पद्धतिंनी करतात.

देखीक : इपीकोटील, सुदारीत इपीकोटील, मृदुकाश्ट, बगल कलम, गुटी. हातुंतली मृदुकाश्ट पद्धतीन केल्लीं कलमां मोठ्या प्रमाणांत जातात, तेखातीर ही पद्धत वापरतात. बियांपासून काजुची लागवड करपाची जाल्यार पयलीं देड ते दोन म्हयन्याचे रोंपे तयार करून लायतात. रोंपे तयार करपाखातीर काजुच्यो बऱ्यो सुकिल्ल्यो आनी वजनदार अशो बियो घेतात. उदकाची वेवस्था आसा त्या जाग्यार काजुची लागवड खंयच्याय म्हयन्यांत करूं येतात. पूण ज्या जाग्यार उदकाची वेवस्था ना, थंय पावस पडनांफुडें जून म्हयन्यांत लागवड करतात. रोंपो वा कलम एक वर्स पिरायेचें जातकच नत्र, स्फुरद हें सारें दितात. कांय वर्सांनी ह्या रोप्यांक पलाश सारेंय दितात. काजुच्या बागांनी नडणी वाडपाक दिवंक फावना. हातांनी वा ट्रॅक्टराचो वापर करून नडणे नश्ट करतात. ग्रामाक्सोन सारक्या नडणेच्या वखदांचो फवारो मारूनय हे नडणेचो बंदोबस्त करपाक जाता. काजुची लागवड कलमां लावन करीत जाल्यार काज बेगीन लागता. कांय कलमी झाडां तर एका वर्साभितरुच फुलतात. तर काजूची बियांपसून लागवड केल्यार ४–५ वर्सांनी झाड लागता. झाडाक नोव्हेंबर – डिसेंबर म्हयन्यांत

फुलां येतात आनी मार्च – मे मेरेन फळां लागतात. फळां पिकतकच ह्या मुट्ट्यांचो बियो वेगळ्यो काडून, मुट्ट्यांचो रोस काडटात. ह्या रोसापसून 'फेणी' हो सोरो तयार करतात. काजुच्या फळाक 'मुट्टो' म्हणटात. तें एक पुश्टीक अशें फळ. ह्या मुट्ट्यांत 'क' जिवनसत्व आसता.

काजीक किडीचो आनी रोगाचो बरोच त्रास जाता. किडींभितर 'रोटो' (Stem bores) आनी 'टी मोस्किटो' ह्या किडींचो चड त्रास जाता. 'रोटो' ही कीड लागतकच काजीचें कांड तशेंच मुळां पोखरता आनी कांडांतलो गोरोप खाता. ताका लागून झाडाच्या कांडांतल्यान मुळामेरेन भुसो तशेंच गम भायर पडटा. ही कीड लागतकच सुरवातीक पानां हळडुवीं जातात आनी मागीर झाड इल्लें इल्लें सुकून मरता. हे किडीचेर नियंत्रण दवरपाखातीर, सुरवातिकूच पानां हळडुवीं दिसनाफुडें कांडाचेर बी. एच्. सी हे वखद सारावपाक जाय. दुसरो उपाय म्हळ्यार रोटो लागला त्या जाग्यावयली थोडिशी साल काडून थंय 'मोनोक्रोटोफोस' ह्या वखदान बुडयल्लो कापूर लावन, काडिल्ली साल परत बांदपांक जाय. बरेच फावट खारो दंव पडून चंवरां करपलीं अशें म्हणटात. पूण तें प्रत्यक्षांत 'टी – मोस्किटो' हे किडीक लागून घडटा. जळारी सारकीच ही कीड दिसता. ती चंवराच्या तशेंच तरन्या खांद्यांतल्यान रोस चोखून घेता. ताका लागून चंवरां आनी खांदयो सुकतात. हे किडीचो बंदोबस्त करपाखातीर येन्डोसल्फान हें वखद चंवरां येतात तेन्ना २० दिसांच्या अंतरान तीन फावट मारतात. तेभायर पानां पोखरपी तशेंच पानांचे आनी चंवरांचे जाळे विणपी किडीचो काजूक थोड्या प्रमाणांत त्रास जाता. हे किडीचेर नियंत्रण दवरपाखातीर फोस्फोमीजेन वा येन्डोसल्फान हें वखद फवारतात. काजूक गुलाबी रोग जावं मर रोगाचो कांय प्रमाणात त्रास जाता. ह्या रोगाची लागण जाल्यार खांदयो तोंकाकडल्यान सुकतात. ह्या रोगाचो बंदोबस्त करपाखातीर पयलीं सुकिल्ल्यो खांदयो कापून उडोवप आनी मागीर झाडाचेर बोर्दो मिश्रण फवारप.

काजीच्यो खांदयो, फळां आनी पानांपसून जायते तरेन उपेग करतात. मुट्टे हे फळ पुश्टीक आशिल्ल्यान ताका 'क' जिवनसत्व आसता. ह्या मुट्ट्यापसून जाम, चटणी, लोणचें तयार करतात. ह्या मुट्टयांचो रोस काडून तापयतात आनी ताचें शुद्धीकरण करून ताचेपसून 'हुर्राक' आनी उपरांत हें 'हुर्राक' शुद्ध करून तांची 'फेणी' तयार करतात. मुट्टयांचो रोस काडून जाल्या उपरांत जो चोथो उरता तातुंतल्यान निमाणो शुद्ध असो रोस काडटात, ताका 'निरो' अशें म्हणटात. हो निरो रूचीक आसता. आनी तातूंत 'क' जिवनसत्व भरपूर प्रमाणांत आसता. काजुचो गर (बियो) रूचीक, भरपूर पुश्टीक आनी वखदी आसता. हो गर चडसो मेकळो खातात. तेभायर हालवो, सांजो, खीर, चिवडो सारक्या खावपाच्या जिनसांनी तो वापरतात. काजू – मोवल्यांचा कीस साखरिचो पिठो आनी दूद घालून काजू – बर्फी करतात. सरते मोवले वा दाबी सारखिच्या पाकांत कालोवन काजू लाडू करतात. काजू – बियांक जें कवच आसता त्या कवचांत एक प्रकारचो दीख आसता. ह्या दिखाचो उपेग तेल – रंग तयार करपाखातीर आनी वेगवेगळ्या प्रकारची किटकनाशकां तयार करपाखातीर जाता. काली तशेंच हेर उदकांतल्यो किडी व्हड्याच्या आंगाक लागच्यो न्ही आनी व्हड्याचें उदकांतलें आंग पिडूड्यार जावंचें न्हय म्हूण ह्या दिखाचो लेप व्हड्याच्या आंगाक सारोवन ताका संरक्षण दितात. कोंडांनी आसता त्या जळारींच्यो अळयो मारपाक ह्या दिखाचो उपेग

करतात. थंडेच्या दिसांनी पांयांक जे कात्रे पडटात, त्या कात्र्यांचेर ह्या दिखाचो लेप लायतात. काजुचे बियेचो दीख मनशाचे कातीचेर वायट परिणामूय करता. दिखाक लागून कात काळी पडून ती सोलता. काजुच्या झाडाचे खडबडीत सालीपसून टॅनीन आनी गम मेळटा. काजुच्या झाडांचें लाकूड फर्निचर तयार करपाखातीर आनी जळनाखातीर वापरतात. तयार केल्ले फेणयेंत सोऱ्याचें (आल्कोहॉलचें) प्रमाण चड आशिल्ल्यान ती चड प्रमाणांत घेतल्यार भलायकेक अपायकारक आसता पूण थोड्या प्रमाणांत सेवन केल्यार, थंडी आनी हेर पिडांचेर 'फेणी' हे एक वखद जावन आसा. विशेश करून, मोसंबी, तोरिंगाच्यो साली, वोंवो अशे वखदी जिन्नस काजू फणयेंत घालून ते कुसयता. हाका कुसयल्लो सारो म्हणटात आनी पोटखण्याचेर एक चमचोभर तो पिल्यार पोटखणे थांबता.

हालिसारां कांय लोक तरणे बिबे चिरून हाडून बाजरांत विकतात. हे बिबे रूचीक लागतात. जून जाल्ले बियेंतलो म्होंवलो काडपाक, बियो भाजच्यो पडटात. मागीर त्यो फोडून म्होंवलो भायर काडची पडटा. आदल्या काळार माडा – चुट्टयांच्यो चुट्ट्यो काडून तांच्यो चुडी पेटोवन, काजी म्हळ्यारूच बियो भाजताले आनी लोखणाची वारांव वा फातर घेवन ते काजी फोडटाले. तशेंच बुराक आशिल्ल्या पत्र्याचे कायलीर बियों दवरून पत्र्यापोंदा उजो करून बियों भाजताले. अशी पद्धत गांवांनी आजय पळोवंक मेळटा. हालिंसरां काजू – म्होंवल्यांचें व्हडलें उद्योगीकरण जालां. कोंकणांत काजू बियो भाजपाचो व्हडल्यो व्हडल्यो फॅक्टरी जाल्यात. फॅक्टरींतल्या भट्ट्यांनी काजी भाजपाचीं कामां आपसूक जावपाक लागल्यात.

काजू बियो तरेतरेच्या आवाटाच्यो आसतात. बारीक, मध्यम आनी खूबच मोट्यो. अती मोट्या बियांक 'भोटे' म्हणटात. भोटो अखंडय आसता. पूण जायतेफावटी भितर आसता तो म्होंवलो ल्हान आसता. देखून भोट्यांत भितर पोकळसाण आसता. हे गजालीवयल्यान कोंकणी भाशेंत 'सामको भोटो' अशी ओंपार मारतात. जेन्ना एखाद्या मनशाक कसलीय गजाल सांगतात, आनी सांगल्या उपरांत लेगीत ती ताका समजलीना, तेन्ना 'हो सामकों भोटो मरे' अशें म्हणटात. आदल्या काळार घरा घरांनी भुरगीं काजू बियो घेवन खेळटाली. चलयो जमनीर राशींनी बियों पसरावन, बियो जिखून खेळटाल्यो, तर चले भुरगे बियो, भोटे घेवन घरा भायर मेकळे हवेंत, बियांचेर भोटो मोखून खेळटाले. भोटो भितरल्यान पोकळ आशिल्ल्यान बियेचेर मोखलो म्हणटकच आपटून बरो उडटालो. हें संगणक युग जाल्ल्यान आजकाल हे असले तरेचे खेळ खेळिल्ले दिश्टी पडनात. भुरग्यांक संगणकाचेर खेळ खेळपाक मेळिल्ल्यान हे आदले खेळ हळूहळू ना जायत गेल्ल्याचे चित्र दिश्टी पडटा. काजूगर देशांत तसो देशाभायर निर्यात करता. खारसो, तिखसो अशे वेगवेगळ्या रूचिचे काजूगर पाकिटांनी बंद करून कोंकणांतलो काजूगर गोंयांभायर भारतांतच न्हय, तर विदेशांतय वता. काजू म्होंवल्यांचे उद्देगीकरण हो कोंकणांतलो एक नामनेचो उद्योग जाला. काजूगरा वांगडाच गोंयांत काजू फेणयेची निर्मिती विक्री आनी वितरण करपाचो उद्योगय तेजीत चलता. विदेशी चलन जोडून दिवपी काजू हें एक मुखेल उत्पादन आसा.

– सं. मं.

काजी फेणी : काजिच्या मुट्ट्यांच्या रोसापासून तयार केल्लो सोरो. असो सोरो फकत गोंयांतच करता.

भारतांत जंय काजी आसात, थंय म्हणजे कोंकण वाठारांत लेगीत असो सोरो तयार करिनात. महाराष्ट्र राज्या अंतर्गत योवपी कोंकण प्रदेशांत गोंयांपरस काजीचें उत्पादन व्हड आसा. थंय लेगीत काजी - फेणी काडीनात. थंयच्या मुट्टयांचो रोस गोंयांत हाडून ताचेपासून काजी - फेणीची निर्मिती गोंयांत करता. आता (२०१०) कोंकणांत (महाराष्ट्र) अशी काजी - फेणी - निर्मिती करपाचो प्रस्ताव महाराष्ट्र सरकाराच्या मनांत घोळटा. ते संबंधी महाराष्ट्र सरकाराच्या विधानसभेत संबंधीत मंत्र्यान तशी माहिती दिल्या. दक्षीण आफ्रीकेक काजी - फेणी काडटात. पूण ते फेणयेचो दर्जो उणो आसून, तिचें मार्केटींगय बरोबर जायना. सद्याक तरी काजी फेणी ही गोंयची खाशेली सोरो निर्मिती आसा. तिका 'ज्योग्राफिकल इंडिकेशन्स इन्स्टीट्यूट' (चेन्नय) हे संस्थेन जी. आय (GI) हें प्रमाण पत्र दिलां (२००९)



काजी फेणीची - भाटी

निर्मिती प्रक्रिया : बियों वेगळे केल्ले पिके मुट्टे एकठांय करून ते फातराचे कोळमेंत (Basin) दवरता. थंय ते पायांनी मस्तून चिड्डून तांचो रोस भायर काडटा. हो रोस कोळमेक आशिल्ल्या तोंडांतल्यान (बुराकांतल्यान) ताका तेंकून पुरिल्ल्या आयदनांत एकठांय जाता. आतां मुट्टे चिड्डून रोस काडपाचीं मशिना आयल्यांत आनी तांचेवरवीं रोस काडपाचें काम चलता. मुट्टे पिळून काडिल्लो रोस भाटयेंत (सोरो काडपाची गांवठी डिस्टीलरी) व्हरता. ही भाटी म्हणजे एक ल्हानशी, सादीशी, वण्टी नाशिल्ली, सावळेपुरतें चुडटां-मल्लाचें पांखे आशिल्ली बांदावळ आसता. आदल्या काळांत कसलीच बंदावळ नाशिल्ले मेकळे जमनीर भाटी आसताली. भाटी ह्या उतरावयल्यानच सोरो काडप हाका भाटी मारप म्हणटा. हे भाटयेंत एकेकुशीक व्हडलें मातयेचें आयदन (भाण) वा तांब्याची मडकी एके व्हड रांदनीर बसयता. तातूंत मुट्टयांचो रोस घालून पोंदचे रांदनींतल्या उज्यान तो शिजयता. ह्या आयदनाचें तोंड घट्ट बंद करता. ह्या आयदनाच्या तोंडा सकयल कांठाक तेंकून एक लाकडी नळी बसयता. हे लाकडी नळयेचें दुसरें तोंक आयदनाक तेंकून थंड उदयकांत भरिल्ल्या दुसऱ्या आयदानांत (पिंपांत) वा टाकयेंत सोडटा. ह्या दुसऱ्या तोंकाची जोडणी पिंपांतल्या उदकांत, उरतली अशेतरेन दुसऱ्या एके नळयेक जोडटा. ह्या दुसरे धातुचे नळयेचो आकार इंग्रजी 'Z' च्या आकाराचो

आसून ताचें दुसरें तोंक उदकाच्या आयदनांतल्यान भायर सरिल्लें उरता. ह्या तोंकाकडच्यान उदक भायर सरचें न्हय म्हणून तें भायर सरता. त्या बुराकाचें वेवस्थीत सिलींग करता. ह्या दुसऱ्या तोंकाचें तोंड एका ल्हानशा आयदनाच्या (कॅन) तोंडांत सोडटा.

रोसाच्या आयदनांत रोस शिजलेउप्रांत तातुंतल्यान जी वाफ तयार जाता ती वाफ रोसाच्या आयदनांतल्या नळयेंतल्यान उदकाच्या पिंपांतले नळयेंत पावता. हे वाफेचे उदकाचे थंडसाणींत बाश्फीकरण जावन तिचें रुपांतर द्रवरुपी (liquid) 'हुर्राक' (arrack) हें पयलें अवस्थेंत जाता. हें हुर्राक ते नळयेच्या दुसऱ्या तोंकाकडल्या तोंडांतल्यान मुखार दवरिल्ल्या कॅनांत एकठांय जाता.

सुमार १०० लिटर रोसांतल्यान सुमार २२ लिटर हुर्राक मेळटा. ह्या हुर्राकांत आल्कोलीक प्रमाण उणे आसता. हें हुर्राक आनीक रोसांत घालून पर्थून शिजयता. दोन कळशे हुर्राक आनी धा डबे रोस अशें ह्या मिश्रणाचें प्रमाण आसता. हे मिश्रण शिजलेउप्रांत पयलींचेंच क्रियेप्रमाण वाफेचें बाश्फीकरण जावन ताचें रुपांतर 'फेणी' ह्या द्रवरूपी सोऱ्यांत जाता.

हे निर्मितेचे प्रक्रियेंत हुर्राक आनी फेणी हाचे वांगडा रुचीक असो 'निरो' हें एक द्रव तयार जाता. मुट्टट्यांच्या ताज्या रोसापासून तें तयार करता. हो रोस आंबेवचे (Fermentation) पयलीं ते घेवचे आसता. भोवतेकडेन 'निरो' करपाखातीर मुट्टट्यांचो बरो रोस वापरीनात. कारण तें आर्थीक नदरेन फायदेशीर जायना. तर मुखेल रोस फेणयेखातीर काडटकीर मुट्टटयांचो जो चोथो उरता, तातूंत थोडो रोस आसता. ह्या चोथ्याचेर जड फातर दवरून तातुंतल्यान जो रोस निस्तरता तो निरो आसता. थंड केल्लो निरो हें गोंयकारांचे एक प्रासंगीक (seasonal) पूण प्रिय अशें पेय आसा.

हुर्राकांत उण्या प्रमाणांत आलकोल आशिल्यान तें प्रासंगीक आल्कोलीक पेय म्हणून वापरता. तें आर्थीक नदरेन फेणयेइतकें फायदेशीर जायना. म्हणून हे प्रक्रियेंतली निमणी फेणयेची अवस्था ही म्हत्वाची थारता. फेणयेंत आल्कोलाचें प्रमाण बरेच आशिल्यान एक परिणामकारक सोरो म्हणून आनी तितकोच खाशेलो काजिचो सोरो म्हणून तिका म्हत्त्व आनी नामना प्राप्त जाल्या. आर्थीक नदरेनय फेणी निर्मिती फायदेशीर जाता. फेणी निर्मिती हो एक थारावीक काळापुरतो कुटिरोद्योग आनी विक्री – खरेदीच्या संदर्भांत एक वर्सूयभर चलपी लघुउद्योग म्हणून मान्यतायेक पावला. सुमार तीन ते साडेतीन लाख लिटर काजू फेणी दरवर्सा तयार जाता. आनी बरेच लोक ह्या वेवसायाकडेन संबंधीत आनी वेवसायाचेर आधारीत वावराचेर काम करतात. काजी फेणयेचो सोरो म्हणून गोंय आनी गोंयाभायर व्हड प्रमाणांत सेवन जाता. तशेंच पोटखणे, खोंकली, जोर जाल्यार फेणयेंत थोडी साखर घालून एक – दोन चमचे तापोवन घेतल्यार अशा पिडांचेर इलाज जाता. आंगाची दूख फेणी पयस करता अशें जाल्ल्यान आंग दुखीखातीर फेणयेचो मसाज करपाची चाल गांवगिऱ्या वाठारांत चलता.

सोरो हें एक उत्तेजक पेय जाल्ल्यान हेर सोऱ्यासारखे काजू फेणयेंतय उत्तेजक घटक आसात आनी ते भलायकेक अपायकारक आसात. जंय सोरोबंदी आसा थंय हेर सोऱ्याप्रमाण काजी – फेणयेचेरय बंदी आसा. जंय सोरोबंदी ना त्या गोंय राज्यांत काजी फेणी निर्मिती करचेखातीर सरकारी परवानो घेवंचो लागता.

– सं. मं.

काजी बियां खेळ : आदल्या काळांतलो गांवगिऱ्या वाठारांतलो एक गांवठी खेळ. हो खेळ उक्त्या आंगणांत खेळटात. काजू – बियों जाता त्या मोसमांत हो खेळ चडसो खेळटात. ह्या खेळांत भोटो (व्हडल्या आकाराची बी) आनी बियों हांचो वापर करता आसल्यान ह्या खेळाक 'भोटो बियां खेळ' वा 'भोट्याखेळ' अशेंय म्हणटात.

हो खेळ वैयक्तीक स्वरुपाचे आसल्यान ह्या खेळांत खेळगड्यांचे पंगड आसनात. दर एक खेळगडो पांच – धा – पंदरा अशे बियों ह्या खेळाक लायता. ह्यो बियों जमनीर एके हारीन उब्यो करता. बियांचे हारीसावन थारावीक अंतराचेर एक कुरू करता. हे कुरवेकडच्यान खेलगड्यान आपल्या हातांतल्या भोट्यान हारिंतले बियेंचेर मोखून एका वांगडा एकच बीं हारिंतल्यान भायर काडची आसता. जी एक बीं हारिंतल्यान भायर पडल्या ते बियेसावन उजवे वटेनच्यो सगळ्यो बिंयो त्या खेळगड्याक मेळटा. ताचेकडल्यान बीं मोखून जालिना वा एका परस चड बियो मोखून पडल्यो तर त्यो पर्थून आसा तशी लावंन दुसऱ्या गड्याक भोटो मोखपाची संद मेळटा. अशेतरेन सगत्ळे खेळगडे आपआपले भोटे मोखून हारिंतल्यो बियो आपणाकडेन हाडटा. हारिंतल्यो सगळ्यो बियो सोंपले म्हणटकीर पर्थून आदलेच तरेन नव्यान खेळ सुरू जाता.

ह्या खेळांत दावेवटेनचे पयले बियेंक चड म्हत्त्व आसता. जो ही पयली बीं मोखता ताका ते हारिंतल्यो सगळ्यो बियों मेळटा. ताचे आदीं कोणेन हेर बियों घेतिल्लो त्योय ताका प्राप्त जाता.

ह्या खेळांत भोटो मारपाचो क्रम एके खाशेले वाटणेन करता. ते वाटणेप्रमाण पयलो, दुसरो, तिसरो.... असो क्रम थारता.

ह्या खेळांत तिरान मोखणी करपाचें कसब लागता. तशेंच ह्या खेळांत पदरच्यो बियों लावन एक तर आनीक बियों हाडप वा पदरच्यो बियों वगडावप जाता जाल्यान ह्या खेळाक जुगाराचें रूप येता. अशें आसलें तरी अशा खेळांत जोडिल्ल्यो सगळ्यो बियों उप्रांत एकठांय भाजून त्यो सगळ्या खेळगड्यांमदीं वाटून खावपाची पद्दत आसली हाका लागून हो खरेल्या अर्थान जुगारी खेळ जायनासताना, तीर जोखपाचें कसब दाखोवपी आनी मनोरंजन करपी खेळ जातालो.

– सं. मं.

काजी बर्फी: काजू–गर आनी साखर घालून केल्लो गोड पदार्थ (मिठाय). सुमार दोन वाटयो काजूगर उदकांत सुमार दोन वरां फुगयतात. हे फुगयल्ले गर बरे धाडावन ताचें कुसकुशीत अशें मेल करता. तें करताना गरजेपुरतें उदक वापरल्यार तें बरें जाता. मागीर हें मेल आनी एक वाटी साखरेचो पिठो एकठांय करून एके व्हडशे कायलींत घालून, मध्यम उज्याचेर कायल दवरची. हें मिश्रण एक सारखें धवळीत रावून, ताचो एक मोवसो गुळो जायसर उज्यार दवरचें. उप्रांत तातूंत एक चमचो तूप, अर्द चमचो वेळची पिठे घालून, उप्रांत तो गुळो सपाट अशा कसलेय वस्तीर पात लावन जायते दाटायेन लाटून घेवचो. पातळिल्ल्या ह्या पात्यार सिल्वर वर्क लावचो. उप्रांत धारेच्या शस्त्रान जायत्या आकाराचीं कापां करचीं. चड करून ही बर्फी लांबट चवकोनी कापांची करतात.

– सं. मं.

काजळ : दोळ्यांचे एक सौंदर्यप्रसाधन. दोळ्यांत काजळ घालपाची पद्धत पुर्विल्या काळासावन चलत आयल्या. पुर्विल्या काळांत कोंरातिल्या शिल्पांनी कितल्योशोच बायलांच्यो मूर्ती शलाका घेवन दोळ्यांत काजळ घालता आसतना दिसतात. सिंधु संस्कृतायेच्या अवशेशांत सुरमेदानी आनी सुरमा दोळ्यांत घालपाच्यो शलाका सांपडल्यात. काजळाच्या एका विशिष्ट गुणधर्माकलागून कार्बनाच्या हेर प्रकारांपासून तें वेगळें आसा. काजळाचे खुबशे प्रकार आशिल्ल्यान ताचें वर्गीकरण काजळ निर्माण करपाच्या पद्धतीप्रमाण केलां. जशें चॅनेल काजळ, उश्ण वायुभट्टीचें काजळ, ज्वलन भट्टीचें काजळ, दिव्याचें काजळ, ॲसिटिलीन काजळ आदी.

काजळांतल्या कार्बनी गुणांक लागून दोळे, तेजिश्ट आनी ओडलायणे दिसतात, तशेंच दोळ्यांक थंडसाण मेळटा. काजळासारकेंच 'सुरमा' नांवाचें एक अंजन चडकरून मुसलमान दादले – बायलो दोळ्यांत घालतात. हाचेंविशीं एक काणी आसा ती अशी : सिनाइ दोंगरार सुयेच्या नेड्यांतल्यान अल्लान मुसाक दर्शन दिलें. मुसां सोमतोच घुंवळ येवन पडलो आनी तो दोंगर लेगीत लासूंक लागलो. तेन्ना अल्लान म्हळें, 'आयज सांवन तुमी ह्या दोंगराची माती बारीक दळात आनी तुमच्या दोळ्यांत घालात. ही माती म्हटल्यार सुरमाची सुरवात म्हणू येता.

आदीं सुरमाकार जात्रांनी आपली पेटी घेवन बसतना दिश्टी पडटाले. कोणाकूय दोळ्यांत सुरमा घालपाचो आसल्यार लोक ताचे म्हऱ्यांत वचून बसताले. सुरमा दोळ्यांत घालपाची एक विशिष्ट अशी एक पद्धत आशिल्ली. सुरमाकार हातींत बारिकशी सरी घेवन ती सुरमांत बुडोवन दोळे बंद करपाक सांगतालो. आनीक बंद दोळ्याच्या पातकड्याचे भितल्ले वटेन लायतालो आनी दोळे उक्तें करपाक लायतालो. हेच पद्धतीन दुसऱ्याय दोळ्याक लावप जातालें.

दोळ्यांक थाकाय दिवपाखातीर, दोळ्यांची नदर सुदारपाखातीर आनी दोळे निवळ जावपाखातीर लोक ह्या सुरमाचो उपेग करताले. आदल्या तेंपार कालो आनी शिगम्याकडेन जावपी नाटकांक लागून जागे उरपाखातीर, लोक सुरमाचो बरेतरेन उपेग करून घेताले. सुरमा घातल्यार जागरणाचो त्रास जायना असो अणभव आसा.

चडकरून बायलो काजळ वापरतात. दोळ्यांचे रोग जावंचे न्हय म्हूण ल्हान भुरग्यांच्या दोळ्यांनी काजळ घालतात. बायलांच्या सोळा शृंगारांत काजळाचो आस्पाव आसा. कांय सवायशिणी बायलो सणांपरबेक काजळ घालतात. अस्तुरेच्या दोळ्यांतल्या काजळाविशीं एक सुभाशीत आसा, तें अशें :

अधरे नववीटिकानुरागो
नयने कज्जलमुज्ज्वलं दुकूलम्।
इदमाभरणं नितम्बिनीना –
मितरद्भूषणमङ्गदूषणाय॥

अर्थ : ओंठांचेर विड्याची रक्तसाण, दोळ्यांत काजळ आनी तलम वस्त्र हेंच खरें अस्तुरेचें अलंकार मंडन. हेर भुशणां हीं तिच्या आंगावेली दुशणांच.

काळ्या रंगाक भुतां खेतां भियेता, असो एक समज आसा. देखून मुंजीक, मुंज्यांक आनी लग्नापरबेक न्हवऱ्या – व्हंकलेच्या गालाक काजळाचो तिबो लायतात. काजळाक लागून वायटाचें निवारण जाता, असो एक समज आसा. ल्हान भुरग्यांक

दिश्ट जावची न्हय म्हूण पोल्यांक, कपलाक तशेंच कपलाचे दावे वटेनूय काजळाचे तिबे लायतात. विधवेन वा जिचो घोव दुसऱ्या गांवाक गेला आसत तर, अशें बायलेन काजळ घालचें न्हय, असो संकेत आसा. काजळ तयार करपाची पद्धत सुश्रुतसंहितेंत आसा. खास करून एंडेलाचे वा तुपाचे वातीचेर तांब्याचें वा मातयेचें पसरट आयदन उमथें धरून काजळी धरतात. ती लोणयांत वा खोबरेल तेलांत वा एंडेलांत कालयतात आनी काजळ तयार करतात. सद्या बाजरांत वेगवेगळ्यो नांवांच्यो तयार केल्ल्यो काजळाच्यो डबयो मेळटात.

– सं. मं.

काजालो : पळयात : काजुलो

काजी – खेळ : पळयात : काज

काजी फेणी : पळयात : काज

काजी बर्फी : पळयात : काज

काजुलो : एकसारको वा मदींमदीं उजवाड दिवपी एक किटक, म्हळ्यार 'काजुलो'. ताच्यो सुमार २,००० जाती आसून, तांचो प्रसार उश्ण आनी समउश्ण कटिबंधांत आसा. कोलिऑप्टेरा गणाच्या लॅपिरिडी आनी फेंगोडिडी कुळांतले काजुले संख्येन खूब, म्हत्वाचे तशेंच सगळ्यांक परिचीत आसात. ते भायर कॅरॅबिडी, सेरॅबिडी, इलेटॅरिडी, पौसिडी आनी स्टॅफिलिनिडी कुळांतले काजुलेय सापडटात. चडशे काजुले फक्त अळी आनी प्रौढावस्थेंत स्वयंप्रकाशी आसतात.

काजुल्यांची लांबाय साधारणपणान २ सें. मी. आसता. ते मोव शरिराचे आसून मंद काळसार, हळडुवे, तांबसार रंगाचे आसतात. तांचे एक खाशेलपण म्हळ्यार तांच्यो मादयो अळी सारक्यो आसतात आनी त्यो हालचाल कमी करतात. नरांभितर उजवाड दिवपी अवयव पोटाच्या सव्या आनी सातव्या खंडांत आनी मार्दीभितर ताच्या फाटल्या खंडांत आसतात.नर बरेतरेन उडूंक शकतात आनी ते भरपूर उजवाड दितात. तांकां पांखां आसतात आनी दोळेय बरे विकसीत आसतात. दिसाचे ते लिपून बसतात आनी रात जातकच लिकी लिकी, पिकी पिकी उजवाड फांकयत भायर पडटात.

पौढावस्थेंत काजुल्यांक खूब थोडें अन्न लागता. तांच्यो अळ्यो मांसाहारी आसतात.

काजुल्यांचो उजावाड चडसो धवो, हळडुवो, पाचवो, निळो वा तांबसार आसता. काजुल्याच्या उजवाडाचो उपेग प्रौढावस्थेंत चड करून नर आनी मादीक एकठांय हाडपाखातीर जाता आसुंये.

काजुल्या संबंधी कोंकणी म्हणी :

१) काजुल्या उजवाड गांडी भोंवती. (ल्हान मनशांचीं कर्तुबां ल्हानच आसतात.)

२) काजुल्या भितीं फालें जातवे (काजुल्याक भियोवन उजवाडना)

३) काजुल्या उजवाड काजुल्या पुरतेंची. (मनशान आपले शक्ती भायली वान्सा धरची न्ही.)

– सं. मं.

काजू : पळयात : काज

काडो : एक गांवठी (घरगुती) वखद. पोंगऱ्या झाडाची साल, अडुळसो, उंदराकान, पुनर्नवा, परिपाट, गंजन, वट्टेलांव, तुळस, उपरसाळ, कांटेकोवर, किरायतें हांचीं पानां, ओंवो, बडिशेप, आलें, गोडेंकाश्ट, सणबियां आनी हेर वखदी वनस्पती एकठांय करून त्यो एकठांय धाडावन, गाडग्यान शिजयता. बरो खतखतो आयलो म्हणटकीर शिजयल्ल्या वखदी वनस्पातीच्या अर्काचें रसायन तयार जाता, ताका 'काडो' म्हणटात. कांयवेळा काड्याक गोडसाण हाडपाखातीर साखर, खडीसाखर वा गॉड घालतात. पूण खरी काड्याची रूच ही कोडूच आसता.

आदल्या तेंपार घराघरांनी, घरांतल्यो जाण्टच्यो बायलो काडो तयार करून, सुमनांतल्यान एकदां चड करून, आयतारा दिसा घरांतल्या सगळ्यांक ल्हान व्हडांक हो काडो पिवपाक दिताल्यो. तो रूचीक बरोच कोडू आसतालो. पूण ताच्या बऱ्या वखदी परिणामाक लागून, लोक तो तोंड वांकडें करून घेताले. ल्हान भुरगीं घेवपाक अनमनूंक लागलीं तर तांचे हात – पांय घट्ट धरून, तोंड उक्तें करून, चमच्यांतल्यान तो तांच्या तोंडांत घालताले. कांय भुरग्यांच्यो आवयो ह्या वखदाचे पेले पदराखाला घेवन गांवांतल्या शाळेंत वताल्यो, थंय हातान बडी घेवन उबो आशिल्ल्या मास्तराच्या धाकान भुरगीं मुकाट्यान घटाघटा करून तो कोडू काडो पितालीं. असो नेमान काडो घेतकीर पोटांतल्यो कसल्योच पिडा जायनात असो आदल्या तेंपार विश्वास आसलो. आदल्या तेंपार आधुनीक वखदां गांवांनी उपलब्ध नाशिल्ल्यान, अशा गांवठी वखदांचो लोक सर्रास वापर करताले. जरी हीं घरगुती वखदां जालीं तरी तांच्या फाटल्यान आयुर्वेदीक वखदाचें तत्त्व आसतालें.

आमच्या एलीपथी, होमियोपेथी आनी आयुर्वेदीक

काड्याची वखदां विकपी

वखदांची आनी तीं दिवपी वैजांची सगळेकडेन व्हड प्रमाणांत उपलब्धी जाल्ल्यान, आतां घरगुती वखदां लोक वापरनात. तीं तयार करपाचें गिन्यान आशिल्लीं मनशांय आतां मेळनात. आता आयुर्वेदीक वखदां तयार करपी कारखान्यांनी आधुनीक पद्धतीन तयार केल्ले काडे, फार्मासिनीं विक्रेक दवरिल्ले मेळटात.

– डॉ. भिकाजी घोणकार

– संदेश श्री. बांदेकार

– सं. मं.

काण : एक वस्त. ही आदल्या तेंपार दादले आपल्या भेंडाक घालताले. ती रुप्या – धातुची सारखी वस्त आसताली. भेंडा भोवतणीं सदळपणान ही वस्त बांदपाखातीर ताका हूक आसातालो. आदल्या तेंपार, भेंडाक रुप्या सरपळी घालप जाताली. ही सरपळी गळ्यांतले भांगरा सरपळीसारखी, पेसां पेसांची पूण तिचे परस मात्शी जाडी आसताली. भेंडाची सरपळी चेपटी तर काण वाटकुळ्या आकाराचें आसतालें. गरीब लोक भेंडाक सरपळी वा काणा सुवातेर सुती – मूज (दोरो) बांदताले. काण ही वस्त गिरेस्तांच्या भेंडार आसताली आनी ताच्या मोलाप्रमाण तें घालतल्याचे गिरेस्तकायेचें मोल करप जातालें.

भेंडाक मूज, सरपळी वा काण घालपा फाटलो मुळावो उद्देश, भेंडासकयल्या, कमरावयलें वस्त्र, भेंडाकडेन बांदपाखातीर आसूंक जाय. उप्रांत सरपळी आनी काण हिका खाशेले वस्तीचें रुप आनी गिरेस्त कायेची खूण अशें म्हत्व प्राप्त जालां आसूं येता.

आधुनीक काळांत, कमरावयल्या वस्त्राची मांडावळ बदल्ल्या. हें वस्त्र कमराभोंवतणीं बांदपाखातीर आतां दोरो, रबर, बुतांव, हूक अशे बंध आयिल्ल्यात मूज, सरपळी वा काण ह्यो वस्त आतां उण्यो जाल्या. हेर वस्तींक गिरेस्तकायेची कुरू प्राप्त जाल्ल्यान, सरपळी, काण हांचे ते संबंधिचें म्हत्त्व उणें जालां.

आंगार धातुची वस्त घालपाची रीत खूप आदींसावन चालू आसा, ताचें फाटल्यान दोन उद्देश दिसता. एक उद्देश अळंकाराचो आनी दुसरो भलायकेचो. थारावीक धातुच्या आंगांत थारावीक वैजकी गूण आसता हें शास्त्र मानून, मनशाच्या वेगवेगळ्या आंगांचेर वेगवेगळ्या धातुंच्यो वस्ती घालपाची परंपरा आसा. ह्या वैजकीशास्त्राक धरूनच भेंडांतली सरपळी वा काण घालपाची रीत सुरू जाल्या जातली. आजय ह्याच उद्देशान ल्हान भुरग्याच्या हातांत, पांयांत तशें भेंडाक धातुंचे अळंकार घालपाची प्रथा आसा.

''म्हाळ पैचें काण गळटलें आनी म्हाका मेळटलें.'' अशी कोंकणींत म्हण आसा. म्हाळ पै ही कोंकणींतली एक गिरेस्त व्यक्ती रेखा. तिचें गिरेस्तकाये आनी शौर्या संबंधीं कोंकणींत कांय आख्यायिका आसात. म्हाळ पै गिरेस्त आशिल्ल्यान, ताचें काण व्हड म्हणजे जड आसतलें आनी तें ताच्या भेंडावयल्यान गळटलें. उप्रांत तें आपणाक मेळटलें अशें म्हाळ पै च्या भोंवतणी लोकांची आशा आसताली. आयती इस्टेट मेळटली म्हणून कोणय आशा धरता तेन्ना ही म्हण म्हणटात.

– सं. मं.

काण्ण : (मराठी : करवंद, हिंदी : करोंदा, गुजराती : करमरडा, कन्नड : कारेकाई, संस्कृत : कंचुका, इंग्लीश : बेगॉल करांट, लॅटीन : कॅरिसा करंडास)

एक रानटी फळ. काण्णाचें झाड म्हळ्यार काण्णीन. भारतांत सगळ्या वाठारांनी चडकरून सुक्या आनी दोंगराळ वाठारांनी हें झाड जाता. काण्ण चडकरून आकारान वाटकुळेंच आसता. पूण केन्ना केन्नाय रानांत लांबश्या आकाराची काण्णाची जात पळोवंक मेळटा. काण्णिनिचें झील चड व्हड जायना. तिचें कांड तीन ते चार मी. ऊंच वाडटा. कांडाक जोडयेन कांटे आसतात आनी ह्या कांट्यांक तेंकून जोडयेन पानां येतात. फुलां रंगान धवीं आनी पांच

पाकळ्यांचीं आसतात. फुलां येवन एकाच म्हयन्यांत फळ तयार जाता. फळां घोंसांनी येतात. काण्ण बरें रसाळ आनी मांसाळ आसता. पिकतकच तें रूचीक आंबट - गोड लागता. फळांत एकामेकांक दशिल्ल्यो चार चेपट्यो बियो आसतात. काण्णां हरवीं आसतना तांचो रंग पाचवो आसतात. तें पिकतकच जांबळें जाता. काण्ण दिखाळ आसता. पिकिल्ल्या काण्णांतूय दीख आसता. हो दीख धवो आनी पांखट आसता. काण्णाचो दीख हाताक लागल्यार हात काळे जातात. काण्ण हरवें आसतना खळांत घालतात, काण्णांचें लोणचेंय करतात. काण्ण

पिकल्या उपरांतूच खातात. काण्णीन कांट्याळी आशिल्ल्यान तिचो उपेग वंय बांदपाखातीर जाता. काण्णिनिचें मूळ वखदी आशिल्ल्यान पांयाक सूज आयल्यार ती काडपाखातीर मुळाचो उपेग करतात. जोर निवळावपाखातीर पानांचो काडो दितात. तशेंच ताचे लाकूड कोरीव वस्तू तयार करपाखातीर वापरतात.

कोंकणांत व्हडा प्रमाणांत (सुमार ५० हजार टन) जावपी काण्णांचो उद्योगीक वेपार करच्या उद्देशान, काण्णांपासून वाईन - निर्मिती (सोऱ्यासारकें मादक पेय) करपाचो विचार महाराष्ट्रांत सरकारी थरार चल्ला. तेखातीर, काण्णाचें उत्पादन वाडोवपाक म्हणून द्राक्षांप्रमाण काण्णांच्यो बागायती करून, खाशेले देखरेखेखाला काण्णांची निर्मिती करपाचो विचारय मुखार येवंक लागला. काण्णाचे वाईनीक फावशी मागणी मेळूंक लागली आनी काण्णाची निर्मिती आर्थीक नदरेन फायदेशीर जावंक लागली तर, इतकी वर्सां दुर्लक्षीत उरिल्लो हो गांवगिऱ्या गरिबांचो रानमेवो, शारांतल्या सुखवस्तू लोकांच्या घरांत पावतलो.

– सं. मं.

काण्णी घालप : एक घरगुती वखदी उपचार. ह्या उपचारांत पिडेकार मनशाच्या दोनी कानसुलांनीं (कानांवयलो तकलेचो भाग) काण्णी घालपी आपल्या दोनीय हाताच्या मुठींनीं दामून धरता. जेन्ना कोणाकूय घुंवळ येता वा जोराक लागून वा आनी कसलेय पिडेक लागून ताची शाबूद वता तेन्ना ताच्या कानावयलो भाग मुठींनीं दामलो म्हणटकीर ताका त्या दाबांतल्यान जाणीव मेळटा आनी तो तितक्यापुरतो तरी शाबुद्धीर येता. तकलेच्या ह्या भागाकडेन आशिल्ल्या शिरांचेर दाब पडिल्ल्यान त्यो सक्षम जाता आनी त्यो पिडेकाराक शाबुद्ध हाडटा. आदल्या काळांत प्राथमीक वैजकी उपचार (First Aid) कसो काण्णी घालपाचो लोक उपचार करताले. आयच्या काळांत आधुनीक, प्राथमीक वैजकी उपचार उपलब्ध आशिल्ल्यान लोक काण्णी घालप हो उपचार वापरिना. तेभायर काण्णी घालप हो उपचार सर्रास सगळ्याच शाबुद्ध गेल्ल्या पिडेकारांखातीर करप धोक्याचे जावं येता. तकलेच्या कांय पिडाखातीर हो

इलाज मारक जावं येता. तशेंच योग्य रितीन काण्णी घालपी मनीसय आतां मेळनात.

– सं. मं.

काणकोण : गोंय राज्याचे दक्षिणेकडलो तेचपरी दक्षीण शिमेवयलो निमणो तालुको आनी कर्नाटक राज्याच्या कारवार जिल्ल्यांतल्यान गोंयांत येतना लागपी पयलो तालुको म्हणल्यार काणकोण तालुको. गोंयचे नवें काबिजादिंतलो हो तालुको गोंयचे राजधानीच्या पणजी शारापसून ८० किलोमिटरांचेर आसा.

कण्व मुनी आदल्या तेंपार हांगा रावतालो आनी तप करतालो. देखून हें 'कण्वपुरम' तशेंच कण्व मुनीचो तपाचो 'कोणसो' (कोण) म्हूण ह्या वाठाराक काणकोण अशें नांव पडलें अशें नामनेचे इतिहास संशोधक प्रा. स. शं. देसाई हाणें बरोवन दवरलां, जाल्यार कोण (कारवार), हणकोण, कठीणकोण, मलेकोण ह्या प्रदेशांप्रमाण तशें हें काणकोण अशें कारवारकार भाव मानतात. प्रा. कृ. पां. कुलकर्णी हाणें 'मराठी भाषा उद्गम व विकास' ह्या आपल्या ग्रंथांत कोंकणचो मूळ धातू काणकोण तशेंच कोंकण हो काणकोणचो अपभ्रंश अशें म्हणला.

मात 'अडवट सिंहासनाधीश्वर महापती काणकोण' ह्या श्री मल्लिकार्जुन देवाच्या बिरुदावलीवेल्यान हांगा अटंग रान आशिल्ल्याचें सिद्ध जाता :

काणकोण तश्यो पुर्तुगेजांप्रमाण बहामनी, आदिलशहा, सौंदेकारांच्यो राजवटी पळयल्यात. अशा ह्या काणकोणचें क्षेत्रफळ ३५२ चौखण किलोमिटर आसा. हांगा ३,२०० मि. मि. मेरेन पावस पडटा. गिमाळ्यांत चडांत चड तापमान ३६ अंश सें. ग्रे. मेरेन जाता, जाल्यार शिंयाळ्यांत उण्यांत उणें तापमान १८ अंश सें. ग्रे. मेरेन आसता. हांगाची लोकसंख्या ४४ हजारामेरेन आसा.

काणकोणांत १० वार्डांची काणकोण नगरपालिका आनी खोल, आगोंद, श्रीस्थळ, गांवडोंगरी, खोतीगांव, पैंगीण, लोलयें – पोळें अश्यो सात ग्रामपंचायती आसात. प्रशासन आनी उदरगतीकडेन संबंदीत मुखेल्यांच्या कार्यालयांवांगडाच एक सरकारी हास्पिटल आनी दोन खाजगी हास्पिटलां हांगा आसात. वट्ट सात आरोग्य केंद्रां गांवगिऱ्या वाठारांनी आसात. एक कोर्ट हांगा आसा. बालवाड्यो, शिशुवाटिका मुळाव्यो शाळा धरून महाविद्यालयीन शिक्षणामेरेनची सोय आज काणकोणांत आसा. तेखातीर वट्ट ७८ मुळाव्यो शाळा, ५ (पांच) उच्च मुळाव्यो शाळा, १६ माध्यमीक शाळा, २ उच्च मध्यमीक विद्यालयां, १ आय. टी. आय. केंद्र, उच्च मध्यमीक मेरेनचें शिक्षण दिवपी केंद्र सरकाराचें जवाहर नवोदय विद्यालय आनी एक महाविद्यालय काणकोणांत आसा. विशेश म्हणल्यार काणकोणाक लोककला धरून संगीत, साहित्य, शिक्षण, सामाजिकता आदी मळांचेर एक गिरेस्त परंपरा आसा. गोंयच न्हय जाल्यार भारत देश स्वतंत्र जावचेपयलींची ही पोरणी परंपरा.

कर्मलघाट ते आंबेघाटमेरेन सिद्धा पान्नां दोंगर, घोड्यापायका दोंगर, बड्डेंचो दोंगर, आंवळी दोंगर, केरये दोंगर, रावणा दोंगर, वाघा दोंगर, रामा दोंगर अशी दोंगरांची सैमीक सोबितकाय काणकोणाक लाबल्या. १०५ चौखण कि. मी. खोतीगांव अभयारण्यान कोणकोणची गिरेस्त वनसंपत आनी जीवावळ राखून दवरल्या. श्री गोकर्ण पर्तगाळी मठाकडलो हजार वर्सांचो पोरणो पुरातन वडारूख

काणकोणच्या पुरातन दायजाचो साक्षिदार जावन आसा.

हिंदवी स्वराज्याचे संस्थापक शिवाजी महाराजांनी अंत्रूज, हेमाड – बारशें, बाळ्ळी, चंद्रवाडी, काकोडें, सांगे आनी काणकोण म्हालांचेर कबजो मेळयले उपरांत राज्याचे राखणेखातीर जे कोट बांदले तातुंतले १६७९ वर्सा बांदकाम सुरू करून खोल वाठारांत अरबी समुद्राचेर उबारिल्लो इतिहासीक Caba-de - Rama (रामाचें भूशीर / खोलगड) हो कोट म्हणल्यार काणकोणच्या इतिहासीक दायजाची कुरू. कृष्णाजी अनंत सभासद ह्या शिवाजी महाराजांच्या पयल्या चरित्रकारान महाराजांनी बांदिल्ल्या ज्या किल्ल्यांचीं नांवां दिल्यात, तातूंत खोलगडाचो उल्लेख मेळटा.

ह्या म्हत्वाच्या इतिहासीक पर्यटन थळावांगडाच गोंयांतल्या नामनेच्या दर्यावेळांमदली पाळोळेंची दर्यावेळ, गालजीबागची दर्यावेळ, आगोंदची दर्यावेळ, देवावेळ (सौंदेकार राजाच्या नांवांवयल्यान जाल्लो राजबाग वाठार), शेंद्रेची वेळ अश्यो वेळो काणकोणांतल्यो पळोवपासारक्यो वेळो. गालजीबागची दर्यावेळ रानखात्याच्या कासव पैदास केंद्राखातीर प्रसिद्ध आसा. आगोंदचे वेळेरूय कासव – पैदास जाता.

गोंयच्या मुखेल न्हंयांमदली तळपण न्हंय काणकोणची. सांगाताक काणकोणांतल्यान गालजीबागची न्हंय, साळेरेची न्हंय अश्यो न्हंयोय व्हांवतात.

काणकोणांत एका वेळार शेतकाम आनी रानांनी कुमेरी, शेतां, सावडी, कामतां हे मोठे धंदे. मात सद्या थोडेशें शेतकाम आनी पारंपारीक भाताचे पीक शिल्लक उरला. तशें उशेलाचें चड करून साकरेच्या उसाचें पीक वाडत चल्लां. मात गोंयभर फामाद आशिल्ली काणकोणाची खोलची दोंगरी मिरसांग तुळेन वाडली ना. सद्या काजू बी आनी काजुच्या मुट्ट्यांपसून रोस काडून भाट्यांनी सोरो काडपाच्या धंद्याक थोडी तेजी आयल्या. चडशे पारंपारीक धंदे बसत चल्ल्यात.

तशी इंडस्ट्रियल इस्टेट आयल्या. चापोली गांवांत एक धरण बांदलां वाहतुकेखातीर NH-१७ आशिल्लोच, आतां तातूंत कोंकण रेल्वेची भर पडल्या. जाल्यारूय उदरगत सादतनाच काणकोणान आपलें दायज सांबाळून दवरलां.

श्री अडवट सिंहासनाधीश्वर महापती काणकोण अशी बिरुदावली आशिल्लो. श्रीस्थळ – काणकोणचे श्री मल्लिकार्जुन देव, तशेंच गांव डोंगरी आनी अवेंचो श्री मल्लिकार्जुन देव आनी तांचो परिवार – देव – देवता (विशेष करून आदीनाथ, सोमनाथ, निराकार) गोंयाक ज्या परशरामाची भूंय म्हूण वळखतात त्या श्रीपरशुरामाचें पैंगीणचें देवूळ आनी परशुराम, पुरुषोत्तम, लक्ष्मी – नारायण, नवदुर्गा, बेताळ हांचे पैंगीण वाठार, गोकर्ण पर्तगाळीचो रामदेवाचो मठ (देवूळ), माशेंचें निराकाराचें देवूळ, लोलयंची केशव, दामोदर, शंकरशें देवळां, खोलचें लक्ष्मीनारायणाचे देवूळ, आगोंदेचें आगोंदेश्वराचें देवूळ, मुडकूडचें लाखणेश्वराचें देवूळ धरून हालिंसरां तातूंत कितल्याशाच देवळांची भर पडल्या. तशीं हांगा बाराजणां आसात. बेताळ आसात सिद्धां पान्नां आसात, ब्रह्मेय आसात. आंध्र प्रदेशांतल्या श्रीशैल पर्वतावयल्या श्री मल्लिकार्जुनाकडेन संबंद आशिल्लो हांगाचो मल्लिकार्जुन आनी थंयच्या चंचू जमातीकडेन संबंधीत हांगाचो आदीपुरीस कुळबी (वेळीप, गांवकार समाज).

काणकोणांत श्री मल्लिकार्जुन देवस्थानांतल्या अवतार पुरसाच्या शिगम्या जालेवेळावयल्यो शिशांरान्नी अवतार पुरसाकडेन संबंदीत हिरामेळ (वीरांमेळ), पैंगीणच्या बेताळाची गड्यां – जात्रा आनी टको, पर्तगाळचो रामदेवाचो तेर (रामनम), माशेंची (बांदावयली) निराकाराची जात्रा (चैत्रपुनव), लोलयेंचो शंकरशाचो दसरो अश्यो कांय नामनेच्यो जात्रा आनी जात्रेवेळावयल्यो दिवजां – भोंवरी तेंचपरी पौषांतले धालो, चवथी वेळावयल्यो फुगड्यो आनी शिगम्या दिसांतले चौरंग, तोणयांमेळ, तालगडी, गोफ आदी नाच म्हणल्यार काणकोणचें संस्कृतीक संचित. झाडो, गुडुल्या गाणें, गावन काणी, बायलांची गार्णी हें काणकोणचे गिरेस्त लोकसंगीत.

तातूंत मागीर जात्रा आनी जात्रेवेळावयलीं नाटकां सुंवारीवादन, काले आनी तातुंतले संकासूर धरून दशावतारी लोकनाट्यां, तातुंतली कट्टीं (मुखवटे), सांजाव आनी जागोर इत्रुजांतली लोकनाट्यां तर आयलींच. सांगातानूच इगर्जिच्या फेस्तांवेळावयलीं तियात्रां आयलीं.

तश्यो काणकोणांत सेंट फ्रांसिस झेवियर, भाटपाल, सेंट तेरेझा ऑफ जेजस, चावडी, सेंट ॲनीस, आगोंद, अवर लेडी ऑफ रोझरी चर्च, सादोळशें, सेंट अँथोनी, गालजीबाग, सेंट सेबस्त्यांव, लोलयें, अवर लेडी ऑफ फातिमा चॅपेल, शेळी, अवर लेडी द् हेल्प ऑफ ख्रिश्चन्स, पैंगीण ह्यो इगर्जी आनी बाकीचीं कपेलां आसात, थंय फेस्तां बी जातातूच. पूण विशेश म्हणल्यार भाटपाल, काणकोणच्या सेंट फ्रांसिस झेवियर इगर्जेंत, सेंट फ्रांसिसाचें बोट आसा आनी ओल्ड गोवाक जाता त्याच दिसा भाटपाल, कोणकोणाय व्हडल्या सायबाचें फेस्त जाता.

काणकोणांत कोळंब हांगा मशीद आसा.

काणकोण ही नामनेचे इतिहास संशोधक आनी साहित्यीक प्रा. स. शं. देसाई आनी डॉ. वि. बा. प्रभुदेसाई हांची भूंय. काणकोण ही हुतात्मो परशुराम श्रीनिवास आचार्य, हुतात्मे केशव सदाशिव टेंगसे, तेरेखोलवीर आल्फ्रेड आफोंसो, डॉ. पुंडलीक गायतोंडे आनी अशाच देशभक्त, राष्ट्रनिष्ठ स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांची भूंय. तशेंच समाज क्रांतीपुरुष राजाराम पैंगीणकार, संगीत क्षेत्रांतले ज्येष्ठ गुरू पं. गोविंदराव अग्नी, गानतपस्विनी अंजनीबाई लोलयेकर, ज्येष्ठ संगितकार लुर्दीनबाब बार्रेटो, नाट्यक्षेत्र – सिनेक्षेत्रांतली कानन कौशल (इंदुमती पैंगीणकर), आशालता वाबगावकर असा ज्येष्ठ आनी नांवास्तीक व्यक्तिमत्वांची ही भूंय.

– कमलाकर म्हाळशी

काणूक : देवाक अर्पण केल्ल्या द्रव्य – दानाचो एक प्रकार. देवाची कृपा जावंची वा देवान केल्ले कृपेची परत फेड म्हणून देवाक धान्य, धन दिवपाची परंपरा आसा. देवदर्शना उप्रांत, हेर दानां (धान्य, फळां, मिठाय) वांगडा पयशे देवाक अर्पण करप जाता त्या दानाक काणूक करप म्हणटात. देवळांत वा देवळाभायर भोंवडी करूंक सरिल्ल्या पालखेंतल्या देवा मुखार अशी काणूक करता. चडशा गांवांनी, गांव–भोंवडेर आयिल्ल्या देवाची पालखी घरा–घरा मुखार पेणीं करता. तेन्ना घरांतली यजमान पालखेंतल्या देवाची पुजा करून, देवाचो आशिर्वाद घेता. ह्या देवदर्शनाची कृतज्ञता म्हणून त्यावेळार द्रव्य रुपान दान करप जाता.

गांवचें देवूळ हें सार्वजनीक स्वरुपाचें जाल्ल्यान, देवळाचो खर्च रासवळ तत्वान करपाची परंपरा आसा.

काणूक हो हे रासवळ धन–संचयाचो एक वांटो आसूं येता. आयचे घडयेक हो रासवळ आर्थीक वेव्हार ना उरता एक धार्मीक विधी कसो जावंन उरला.

– सं. मं.

कातकरी जमात : पळयात : समाज कोंकणी

कातली : नाल्लांतलो गर. माडाक शिंमट्यांनी (घोंसांनी) फळां जाता तांकां नाल्ल म्हणटात. ह्या नाल्यांच्या भायल्या आंगांभितर, म्हणजे काथ्याच्या सोण्णांभितर नाल्लाची बी आसता. ही बी म्हटल्यार दाट, तणक, वाटकुळें वा लांबट कट्टें आनी कट्ट्याभितर पावते अर्द इंच दाटायेची कातली (गर) आनी उदक आसता. कातली कट्ट्याच्या भितरल्या आंगांक घट्ट धरून आसता आनी कातलेचे पोकळेंत उदक आसता. तन्न्या नाल्लाची (आडसराची) कातली मोव आनी पातळ आसता. तातुंतलें उदकय चड आसता. जून नाल्लाची कातली घट आनी उदक उणें आसता. तन्न्या नाल्लाची कातली आनी उदक एक फळ खाण म्हण खातात. जून नल्लाची कातली निखटी खावपाक जड वता. तिचो वापर हुमण, कडी, भाजी, रोस, चिकन, मणट, सुकें आनी तत्सम पदार्थांखातीर वापरता. पंचखाद्य ह्या पांच खाद्यांच्या नैवेद्यांत किसलेल्या कातलेची सोय वापरता. कातलेच्यो फोडी करूनय निवेद्य करता. ताका 'शिन्नी' म्हणटा.

पातोळ्यो, मुडखे, मुरचळ्यो सारक्या खाणांनी कातलेचे सोयेचें चून (सोय, गॉड, वेळची) वापरतात. सुके कातलेके "खोबरें" म्हणटात.

कातले वयल्यान जाल्ल्यो कोंकणी म्हणी :

१) कातली गोड म्हणून कट्टी चाबची वे? (जें बरें तेंच घेवंचें.)

२) कातलेन खांवचो फोव, नशिबान भोगचो घोव. (घोव बायलेचो सभाव जुळलो तर संसार बरो जाता.)

पुरक नोंद : आडसर, खोबरें, नाल्ल, माड.

– सं. मं.

कात्यायनी बाणेश्वर : शाक्तपंथीय लोकांची ही एक देवता. सप्तशतीच्या देवी कवचांतल्या ३ ते ५ व्या श्लोकांत 'कात्यायनी' ही आदिमाया आदिशक्ती नवदुर्गेचो सवो अवतार अशें म्हळां. ते श्लोक जावन आसा अशें :

प्रथम शैलपुत्रीति, द्वितीयं ब्रह्मचारिणी,
तृतीयं चन्द्रघण्टेति, कूष्माण्डेति चतुर्थकम्,
पंचमं स्कन्दमातेति, षष्ठं कात्यायनिती च,
सप्तमं कालरात्रिश्च, महागौरीति, चाष्टमम्,
नवमं सिद्धिदात्री च नवदुर्गा : प्रकीर्तितः।

कात्यायन ऋषीन तिची आराधना केली. ती सान कुमारिका जावन ताच्या आश्रमांत रावली. देखून 'कात्यायनी' हें नांव तिका पडलें.

हे देवतेचो उल्लेख स्कंदपुराणांत मेळटा. परशुरामान आपली भूंय कश्यपाक दान केली. उपरांत स्वताखातीर सुवात निर्मूंक सह्याद्रीच्या रामघाटावेल्यान बाण माल्लो आनी दर्याक पयस धुकल्लो. ते सुवातेक 'सप्तकोंकण' अशें म्हणपाक लागले. जाल्यार ताणें मदले सुवातेर जंय बाण मारिल्लो थंय बाणवल्ली (आतां बाणावली) अशें

म्हणपाक लागले. परशुरामाक, ह्या बाणावली गांवांत कात्यायनीचें देवूळ बांदचें, असो ब्रह्मवाणीवरवीं साक्षात्कार जालो. ताणें तेप्रमाण कात्यायनीचें देवूळ बांदले.

साश्ट म्हालाच्या बाणावली गांवांत कात्यायनी बाणेश्वराचें देवूळ आदल्या काळासांवन आसलें. १५४० ते १५४५ च्या सुमाराक पोर्तुगेज आनी जेजुईत कॅथॉलिक मिशनऱ्यांनी हेर देवळांवांगडा ह्याच देवळाचो विध्वंस केलो. देवूळ मोडटकच देवतेच्या म्हाजनांनी देवतेची मूर्त एका ल्हान व्हड्यांतल्यान अरबी दर्यांतल्यान दक्षिणेक कारवार हांगा व्हेली. अंकोला म्हालांतल्या बेळेकरी गांवांत दर्यावेळेर देवीची थापणूक जाली.

एक फावट पोंवळेकार नांवाच्या वेपाऱ्यालो मचवो दर्याच्या चिखलांत मुगरलो. तेन्ना वेपाऱ्यान ह्या संकश्टांतल्यान सोडयल्यार आपूण मचव्याच्या आकाराचें देवूळ बांदतलों, अशें सांगून घेतलें. मचवो बरे तरेन पावलो आनी ताका तातूंत खूब फायदो जालो. वेपाऱ्यान खोशी जावन मचव्याच्या आकाराचे देवूळ बांदलें, थंय देवीची थापणूक केली. मंगळारा माघ शुद्ध नमी दिसा देवीची नवे वास्तूंत प्रतिश्ठापना केली. हें देवूळ बेळेकेरी सावन दक्षिणेक सुमार ३ कि. मी. अंतराचेर अवशें गांवांत श्री भूदेवी हे थळावे देवतेचे मान्यतायेन बांदलें.

देवीचें रूप कुमारिकेचें आसून तिच्या उजव्या हातांत तलवार आनी त्रिशूळ, दाव्या हातांत शंख आनी महिषासुराची जिबली आसा. तिची मान फुडलेवटेन (सन्मुख) बागवल्ली आसा.

श्री बाणेश्वराचें लिंग, गणपतीची मूर्त, रामपुरुष, ग्रामपुरुष, निराकार वाठाराचो राखणदार, शाबरी तंत्रांतलो काळभैरव आनी दाड हे दोगूय गण, हो कात्यायनीचो परिवार जावन आसा.

दर शुक्ल नमीचे राती देवीची पालखेंतल्यान मिरवणूक काडटात. देवीची पालखी भायर काडटना खाक घुडी धरतात. प्रभू आरत – घांट तर किर्तनी ताळ घेतात. आश्विन आनी माघांतल्या पाडव्याक कौल – प्रसाद जाता. आश्विन शुद्ध पुनवेक ग्रामपुरसाचो भार गांवकाराचेर येता. तो तापिल्ल्या तेलांतल्यान वडे काडटा. गांवकार घराण्याक सुतक वा सुयेर आसल्यार प्रभू कुटुंबांतल्या मनशाचेर भार येता.

वैशाखांतली वसंत पुजा (पानकपुजा) आनी माघ तशेंच आश्विन शुद्ध नमीचे उत्सव, आश्विन शुद्ध दसमीचें 'कुमारिका पूजन' हे म्हत्वाचे उत्सव आसात.

कात्यायनीचें संगमरवरी फातराचें एक देवूळ महाराष्ट्र राज्यांत 'कोल्हापूर' हांगा आसा. कात्यायनीचो एक मठ मंगळूराक आसा. कात्यायनीचें स्त्रोत अशें आसात.

सर्व मंगल मांगल्ये शिवे सर्वार्थसाधके।
शरण्ये त्र्यंबके गौरी कात्यायनी नमोस्तुते॥
शरणागत दीनार्त परित्राण परायणे।
सर्वस्यार्ति हरे देवी कात्यायनी नमोस्तुते॥

– सं. मं.

काती : माडार चडून, सूर काडपी रेंदेराचें हत्यार. हें हत्यार व्हिल्याच्या आकाराचें (वाटकुळें) पूण रूंद, पातळ पात्याचे आनी धारेचें आसता. तें तिख्याचें करता. ताचें पातें चंद्राच्या आकाराचें आसून, हातांत धरपाक ताका तिख्याचीच वाटकुळी मूठ आसता.

रेंदेर हे कातयेन 'शेव' घाल्ता. शेव घालप म्हणजे माडाचे पोंयचो वयलो भाग, जातुंतल्यान माडाचो रोस



काती घेवन रेंदेर

म्हणजे 'सूर' गळटा, तो दिसपट्टो नव्यान कातरचो लागता. तरच तातुंतल्यान दर दिसा सूर गळटा. तें काम तो कातीन करता. तेभायर, पोंयक कात्रो घालप, ह्या कात्र्यांत चुट्टी घलापाखातीर चुट्ट्यो कातरप, पिकिल्लीं, सुकिल्लीं-चुट्टां कातरप, आडसरांचे देंठ कापप, पोंयक बांदून दवरपाखातीर लागता ते 'गबे' तयार करपाक चुट्टाच्या पिड्याच्यो पट्ट्यो (साली) कातरप अशीं जायतीं कातरपाची कामां काती करता जाल्ल्यान तिका काती हें नांव पडलां आसूं येता.

– सं. मं.

काथो : नाल्ल आनी सुपारी हेभायर आंबो, आंबाडो हांचे घट बियेचेर वा फळाच्या भितरल्या कवचाचेर आशिल्ल्या केंसाळ आवरणाक 'काथो' (Coir) अशें म्हणटात. मल्याळम भाशेंत काथ्याक 'कायारू' (Kayaru) म्हणटात.

माडाचो 'पिडो' वा 'शेवक' हांच्याय तंतूक वा धाग्याक काथो अशें म्हणटात. पूण सादारणपणान नाल्लाची निबर तिकतिकीत कट्टी आनी वयली साल वा कात हांच्यामदल्या धाग्यांच्या मोव आवरणाक 'काथो' अशें म्हणटात. काथो हो भायले कातीचो (सोण्णाचो) एक भाग आसता.



सैमीक अवस्थेंत काथो म्हळ्यार ल्हान (३-५ सें. मी), मध्यम (५-१५ सें. मी.) आनी लांब (१५-३५ सें. मी.) धाग्यांचो वा तंतूंचो, भुशाक लागून एकठांय उरिल्लो एक चोमो. हो चोमो पिंजून तंतू वेगळे करूं येतात. यांत्रीक पद्धतीन वा हातान हें तंतू वेगळे करून ताचो काबळो तयार करतात. सुसोवणी वा पिंजप केल्या उपरांत ताचे तीन विभागांत वांटे जातात :

१) शेंदऱ्यो तयार करपाचे धागे २) लांब वा मोटवे धागे ३) काबळो.

१) शेंदऱ्यो तयार करपाचो धागो तरण्या

नाल्लांतल्यान (१० ते ११ म्हयने पोरन्या) काडटात. शेंदऱ्यांचीं वा राजवांचीं आनी दोरयांचीं सुतां कातपाखातीर हो सगळ्यांत लांब आनी लवचीक असो धागो वापरतात. २) मोटवे धागे लांबायेन उणें आशिल्ल्यान तांचो उपेग सारण, झाडू करपाखातीर जाता. हाच्यो १ बांदणी, २ बांदणी आनी ३ बांदणी अशो प्रती आसतात. ३ बांदणी प्रतिचो धागो सगळ्यांत लांब आनी सगळ्यांपरस बरो आसता.

३) काबळो हो सगळ्यांत ल्हान धागो. ताचो उपेग गादयो, खुर्च्यो वा सोफांखातीर जाता.

मोटवे धागे आनी काबळो भरसून आनी वळून केन्नाय 'कुल्लां' आशिल्लो धागो तयार करतात. ह्या धाग्याचो उपेग रबरमिश्रीत काथो तयार करपाखातीर जाता.

काथ्याचेर दर्याच्या उदकाचो कांयच परिणाम जायना. चुनो आनी सोडियम सिलीकेट भरशीत जाल्यार ताचेर उज्याचोय परिणाम जायना. काथो आपल्या वजनापरस आठ पटीन चड उदक शोषून घेवंक शकता. रबरमिश्रीत काथो तयार करपाखातीर आनी यांत्रीक पद्धतीन काथ्याचे धागे तयार करपाखातीर डावनस डिकॉर्टीकेटर सर्रासपणान वापरतात. सोण्णां उदकांत भिजयल्याबगर वा कुसयल्याबगर पिंजपाचे हे प्रक्रियेंतल्यान मोटवो धागो आनी काबळो मेळटा.

सगळ्यांत बरे प्रतिचो धागो नाल्ल पाचव्या रंगाचो आसतना तांची सोण्णां काडटकच मेळटा. हीं सोण्णां काडून तीं एका फोंडांत उदक घालून तातूंत फुगत घालतात. हांचेर सुक्ष्मजीव प्रक्रिया जावन ती कुसपाखातीर ६ ते १२ म्हयने वतात. न्हंयची खाडी वा खारसाणिचें उदक, सोण्णां कुसोवपाखातीर चड उपेगाचे थारता आनी हाकालागून काथ्याक झगझगीत कोर मेळटा.

सोण्णां मोव जाल्याउपरांत तांकां लाकडाचे खुंटयेन, चड करून चिचेच्या लाकडाचे खुंटयेन धोडायतात. हाका लागून काथो आनी भुसो पुरायपणान वेगळो जाता. उपरांत तो सुकोवन, ताका हातान वा चक्राचेर काततात.

भारतांतले केरळ राज्य काथ्याच्या उत्पादनांत बरेंच फुडें. काथ्यापासून सूम, सुतली, शेंद्र्यो आदी उपेगी वस्तू तयार करप पयलीच मलबारांत सुरवात जाली. गोंयच्या 'कळंगूट' जातीच्या नाल्ल्याचें सोण्ण 'बाणावली' जातीच्या नाल्लापरस चड दाट आशिल्ल्यान, ताचो काथो तयार करपाखातीर चड उपेग जाता. सोण्णां कुसोवन काथो काडपाचो उद्योग चोपडें न्हंय (शिवोले – कोलवाळ) आनी तेरेखोल न्हंय (केरी – पेडणें) हांगा चड जाता. म्हापशां आनी दिवचल (कारापूर) हांगाच्या उद्योगीक वसाहतींनी दोरयो तयार करपाखातीर काथ्याचे धागे काडपाचो उद्योग चलता. काथ्याचे वेगवेगळे तरेन उपेग जातात. शेंदऱ्यो आनी मॅटिंग, कपडो, नकली पारवीं आनी ध्वनी निरोधक, गालिचे, कांबळी (काथ्यांत वूल भरसून), पांयपुसणीं, गादयो आनी सोफा वा मोटार गाड्यांची सिटां, वाहनां आनी रेल्वे उद्योग, नाजूक वस्तुंचे पॅकींग, वातानुकुलनी उपकरणां, बोटींचे आनी व्हड्यांचे उद्योग, वायू गाळणी, तेल गाळणी (ऑलिव्ह तेल), दर्यांत खोलमेरेन घाल्ल्यो केबल्स, नुस्त्याचीं जाळीं विणप, तरेकवार झाडू आनी ब्रश तयार करप, गोरवां आनी हेर पोशिल्ल्या जनावरांखातीर दावीं, राजू आनी दोरयों, रेवेंच्यो पोतयो आदी सगळ्या वस्तिंनी काथ्याचो भोव उपेग जाता. काथो रोकडोच पेट घेता. पूण सवकासायेन जळटा, हाका लागून गांवगिऱ्या वाठारांनी चुली पेटोवपाखातीर ताचो उपेग करतात. गोंयांत खावपाचे जिन्नस शिजोवपाखातीर सोण्णांच्या उज्याचो उपेग

करतात. तो भट्टी वा खोर्न पेटोवपाखातीरय वापरतात. फाटीच्या कण्याचे आनी तंत्रिका तंत्राचे (Nervous System) विकार आशिल्ल्यांक काथ्याचे पातळ गादयांचेर न्हिदपाची डॉक्टर शिफारस करतात. काथ्याची उश्मीय संवाहकता उणी आशिल्ल्यान गिमाच्या दिसांचे गरमेंत काथ्याच्या हांतरुणाचेर न्हिदिल्यान शितळसाण मेळटा.

– सं. मं.

कादंबरी कोंकणी : पळयात : साहित्य – कोंकणी

कान्हेरी : बौद्ध लेण्यांखातीर प्रसिद्ध आशिल्ले महाराष्ट्रांतलें नामनेचें स्थळ. ही लेणी मुंबयच्या उत्तर दिकेक आस्पावता. सुमार २६ कि. मी. अंतरार साळशेट (साष्टी) जुंव्यार ११२ गुफांनीं शिपडिल्लीं दिश्टी पडटा. 'कृष्णगिरी' ह्या शब्दाचो 'कान्हेरी' हो अपभ्रंश. हांगा आशिल्ल्या फातरपट्यांचेर वेगवेगळे लेख बरयिल्ले वाचूंक मेळटा. हाचेवयल्यान ह्या लेण्यांची सुरवात गजसेन आनी गजमित्र ह्या श्रेष्ठिंनी गौतमीपूत्र सातकर्णी हाच्या काळांत केल्या आसूं येता. ७८ व्या गुफेंतल्या एका लेखावयल्यान हांचे खणकाम राष्ट्रकूट वंशातल्या पयल्या अमोघ वर्साच्या कारकिर्दींत (८१४-८८०) चालू आशिल्ले अशें दिसून येता. सुरवातीचीं लेणीं हिनयान पंथांचीं आसून, ताचें उपरांतची लेणीं महायान पंथाचीं आशिल्लीं अशेंय ह्या लेण्यांतल्या अवशिष्ट भागांचेर नदर मारल्या उपरांत दिसून येता. हांगा आशिल्ल्या धाव्या आंकड्याचें लेणें एका व्हड सभा घरासारकेंच आसा. तांची लांबाय २६.५ मी, रुंदाय १२.२५ मी आनी



उंचाय १५.५ मी आसा. तशेंच ३५ व्या गुफेंतली सभाघर व्हड आसून हे गुफेंत एक शिल्प फलक आसा. तातूंत पद्मपाणी, तारादेवी आनी बोधिसत्व हांच्यो सुंदर आकृत्यो पळोवंक मेळटा. हेभायर नागराजा, नागिणी आनी धोंपरां तेकून पुजा करपी भक्तांचे / भाविकांचे दृश्य 'एका कोनशाक दिसता. ह्या गुफेंतल्यान उजव्या कोनशाक दिपांकरजातक कथेंतली कांय आकृत्यो दिसतात. हातूंत आनिकूय लेणी आसात. बौद्ध भिक्षुकांखातीर ल्हान ल्हान कुडी बांदिल्ल्यो दिश्टी पडटा. पूण उत्तर दिकेक आशिल्ल्या तीन गुफांनी तीन डागोबा आनी खणिल्ले ३४ खांबे आसात. तांच्या माथ्यार शिल्पकृत्यो केल्ल्यो दिश्टी पडटा. थंयच बुद्धाच्यो आनी अवलोकितेश्वराच्यो भव्य मुर्ती आसात. ते भायर ह्या गुफेच्या पांख्यार लाकडी काम केल्ल्याचो पुरावो मेळटा. कांय गुफेंत वण्टी चित्रांचें रखोटन पळोवंक मेळटा.

– सं. मं.

कान्हेरे, अनंत लक्ष्मण : (जल्म : १८९१, आयनी – मेरे रत्नागिरी – महाराष्ट्र; मरण : १९ एप्रील १९१०, ठाणे – महाराष्ट्र)

एक स्वातंत्रसैनीक. इंग्लीश शिक्षणाखातीर तो आपल्या मामा कडेन औरंगाबादाक गेलो. कांय वर्सांनी अनंत गंगाराम मारवाडी हाचेकडेन भाड्याची कूड घेवन रावपाक लागलो. नाशिकाच्या स्वातंत्र्यवादी गुप्त संस्थेच्या काशिनाथ टोणपेन गंगाराम आनी अनंताक गुप्त संस्थेचो सोपूत दिलो. मदनलाल धिंग्रान कर्झन वायनीक मारिल्लो. अनंतूय तशेंच करपाक अधीर जाल्लो. मागीर गंगारामान अनंताची परिक्षा घेवपाक ताच्या हातार तापिल्लो लोखणाचो चिमटो दवरून आनी एकदां पेटिल्ल्या दिव्याची तापिल्ली कवची दोनूय हातांनी धरपाक सांगून ताची परिक्षा घेतली. दोनूय दिव्यां करूनय अनंताची मुद्रा निर्विकार आशिल्ली.

ह्याच सुमाराक नाशिकाच्या जिल्लोधिकारी पदाचेर जॅक्सन नांवाचो क्रूर अधिकारी आशिल्लो. ताणें खरे वकील, कीर्तनकार तांबेशास्त्री, बाबाराव सावरकार ह्या देशभक्तांक बंदखणींत धाडिल्ले. जॅक्सनाक जिवेशीं मारपाक अनंत कान्हेरेन पिस्तुलाचे

नेमबाजीचो सराव केलो. जिल्लोधिकारी कार्यालयांत वचून ताणें जॅक्सनाक पळयलो. जॅक्सनाक मारतकच फांसार वच्चें पडटलें, तेन्ना आवय बापायक याद म्हूण आपलो फोटो आसचो म्हूण ताणें स्वताचो एक फोटो काडून घेतलो.

२१ डिसेंबर १९०९ दिसा जॅक्सनाच्या सन्मानाखातीर नाशिकाच्या विजयानंद नाट्यघरांत किर्लोस्कर नाटक मंडळीचें 'शारदा' नाटक दवरिल्लें. जॅक्सन दारांतल्यान नाट्यघरांत येता आसतना, पयलींच येवन बशिल्ल्या अनंतान जॅक्सनाचेर फार

मारलो. गुळी ताच्या काखेंतल्यान गेली. रोखड्योच ताणें चार गुळयो मारल्यो. जॅक्सन जाग्यारूच पडलो.

जॅक्सनाक मारले उपरांत अनंत ताचें सहकारी अण्णा कर्वे आनी विनायक देशपांडेक फांशीची ख्यास्त जाली. १९ एप्रील १९१० दिसा ठाण्याचे बंदखणींत सकाळीं ७ वरांचेर हे तिगूय क्रांतिकारक फांसार गेले. ताच्या सोयऱ्यांची विनवणी आयकनासतना ब्रिटीश सराकारन ठाणेचे मानशी कुशीक तिगांयचे कुडीक अग्नी दिलो. तांच्यो अस्थी कोणाकूच मेळच्यो न्हय म्हूण तांची रक्षा उदकांत उडयली.

अशेतरेन ब्रिटिशांच्या चपक्यांतल्यान देश स्वतंत्र करपाच्या ध्येयान तरणे पिरायेचेर म्हळ्यारूच पिरायेच्या १८ व्या वर्सा देशाखातीर ताणें जिवाचें बलिदान दिलें.

– सं. मं.

कान्यगड : केरळ राज्यांतल्या, कासरगोड जिल्ल्यांतलें, कोंकणी मनशांचो व्हड राबितो आशिल्लें एक शार. कासरगोड शारापासून २८ किलोमिटराचेर कान्यगड आसा.

कान्यगडची लोकसंख्या ६५,५०० आसा. हांगचे साक्षरताय प्रमाण ७४ टक्के आसा. हांगचे लोक मुखेलपणान मल्याळम् भास उलयता. तिचे फाटोफाट कोंकणी, तुळू आनी कन्नड भास उलयतात.

शेती आनी नुस्तेमारी हे दोन हांगचे मुखेल व्यवसाय आसात. रबर, मिरसांग, काजू कणंग, आलें, नाल्ल, भात आनी तंबाखू हीं हांगचीं मुखेल पिकां आसात. दर्यादेग आनी न्हंयचो उपेग नुस्तेमारी खातीर जाता. हांगचे बरेच तरनाटे आतां गल्फ देशांनी नोकरेखातीर वता जाल्ल्यान हांगच्या अर्थकारणांत आतां गल्फाच्या पयशांचो प्रभाव पडूंक लागला. कासरगोड जिल्ल्याचें वेपारी केंद्र म्हणून कान्यगडाक नामना फाव जाल्या.

कान्य गड हें केरळांतलें एक म्हत्त्वाचें पर्यटन केंद्र आसा. हांगचो होसदुर्ग आनी थंयचे शीव मंदीर, बेकल किल्लो आनी थंयचें हनुमान मंदीर, गौड सारस्वत ब्राम्हण समाजाचें लक्ष्मी व्यंकटेश मंदीर, गुरुवानम धर्मस्थळ, अदोतवन, दुर्गा मंदीर, नित्यानंद आश्रम आनी आनंदाश्रम हीं दोन आध्यात्मीक केंद्रां, अळामी पळ्ळी मशीद, आरंगडी जुमा मशीद, रानीपुरम हील स्टेशन आनी दर्या – देगो हीं हांगचीं कांय मुखेल पर्यटन स्थळां आसात.

– सं. मं.

कानांतले अलंकार (वस्ती) : पळयात : कोंकण (वस्ती)

कानापो : एके तरेचो लाकडी बांक. हो बांक सर्वसादारण बांकापरस चड रुंद आनी खाटीपरस उणो रुंद आसता. ह्या बांकाक एकेवटेन बसकेपरस उंच अशी, फाट तेंकोवपाक मेळटा तशी एक लोडासारखी आडावणी आसता. आदल्या काळांत अशे कानापे, मध्यम वर्गांच्या घरांतल्या बसके कुडींत (चौखांत) आसताले. ते ऐस पैस आशिल्ल्या कारणान तांचो बसपाक तेचपरी न्हीदपाकय उपेग जातालो. आतांच्या काळांत सोफा ही बसकेच्या कुडिंतली सर्वसादारण बसका जाल्ल्यान, आदले कानापे आतां दिसना.

तरीय एक पारंपारीक वस्त म्हणून कानापो एका फॅशन बसकेच्या रुपांत आधुनीक घरांनी आतां पर्थून दिसपाक लागला.

– सं. मं.

कानुलें : कानांतलो मळ काडपाचें आवत. आदल्या काळांतले दर घरांत आसपी हें ल्हान आकाराचें आवत तांबे वा रुप्याचें आसतालें. पळये आकाराचें हें चेपटें वा वाटकुळें कानुलें सुमार स सेंटीमिटर लांबायेचें अर्द सेंटीमिटर रुंदायेचे आनी



इयर बड्स



कानुलें

सुमार पाव सेंटीमिटर दाटायेचें आसता. ताच्या एका तोंकाक पळयेक आसता तशें वाटकुळें मील (पोकळी) आनी दुसऱ्या तोंकाक पळयेसारखीच हातांत धरपाची दांडी आसता.

आदल्याकाळांत कानांतलो मळ काडपाखातीर, मिलावटेनचो भाग कानांत घालून कानुलें घुंवडायताले. तशें घुंवडायतकीर कानांतलो मळ कानुल्यांतल्या मिलांत एकठांय येतालो. मागीर कानुलें कानाभायर काडून मिलांतलो मळ पुसून घेवंन पर्थून कानांत घालताले.

धातुच्या कानुल्याच्या घस्टणेंतल्यान कानांतल्या भितल्ल्या भागाक (विशेश करून कानाच्या पड्ड्याक) दुखापत जावपाची शक्यताय आशिल्ल्यान, ताचो वापर करपाक वैजकी शास्त्राची मान्यताय ना. कानुल्याच्या जाग्यार आतां प्लासटिकाचे काडयेक कापसाचे गुळे लायिल्ले 'इयर बड्स' आयल्यात. कापसाचो गुळो कानांत वता जाल्ल्यान, तो कानुल्याइतको धोकादायक जावंक शकना असो दावो आसा. तरीय, इअर इस कानांत घालता – काडटाना आनी कानांत घुंवडायताना, कानाक इजा ना जावपाची जतनाय घेवपाची गरज आसता.

कानांत चडूच मळ जाल्लो आसत तर कानाच्या दोतोराक कान दाखोवप चड बरे.

– सं. मं.

कापूर : एक सुगंधीत तशीच वखदी वनस्पत. कापराचें झाड कांडान आनी उंचायेन खूप व्हड. ह्या रुखाची साल भायल्यान खडबडीत आसता. हाची पानां पाचव्या हळडुव्या रंगाची आसता. हीं पानां वासाळ आसता. ताका हळडुव्या रंगाचीं ल्हान – फुलां फुलतात आनी ल्हान वाटकुळीं घोसांनी फळां लागतात. कापूराच्या ह्या रुखाचे वेगवेगळे प्रकार आसात. 'दक्षिणवलनी कापूर' आनी 'वामवलनी कापूर.' दक्षिणवलनी कापूराक जपानी कापूर, लॉरेल कापूर, फोर्मोसा कापूर वा डिंक – कापूर अशीं नावां आसात. वामवलनी कापूर मॅट्रिकारिया पार्थेनियम ह्या वनस्पतीच्या तेलांत सापडटा ताका 'मॅट्रिकारिया कापूर' अशें म्हणटात. भारतीय कापूर 'कर्पूर तुळस' (Ocimum Kilimands Charicum) ह्या नांवान वळखतात. प्राचीन काळांत चीन आनी अरब

देशांकडेन वेपार सुरू जाल्या उपरांत भारतांत कापूर पयलीं आयलो.

संवसारांत कापूराच्यो कितल्योशोच जाती आसात. हातुंतल्यो कापूराच्यो मुखेल जाती दोन आसात. १) सैमीक कापूर २) संश्लेषित कापूर.

१) सैमीक कापूर : (हिंदी : मरकपूर, कन्नड : कप्पूर, संस्कृत : कर्पूर, इंग्लीश : कॅम्फर) सादारणपणान हे झाडाची उंचाय सुमार १३ मी. आसता. जून झाडांक पोंदच्यान चड पानां आसनात. पूण वयल्या भागांत दाट पानांभार आसता. पानां सुकल्या उपरांत जीं तांबसाण येता ती पळोवपाक आकर्शीत दिसता. हीं पानां सादीं, मध्यम आकाराचीं, एकाआड एक, व्हड – तांतयां आकाराचीं, लांब तोंकांची, दाटसाण आशिल्लीं, वासाळ, गाड पाचवीं, चकचकीत आसून तीं पोंदच्यान निळ्या रंगाची आसता. पानांच्या मदल्या शिरेच्या दोनूय वटेनीं एक मोठी शीर दिसता. पानांच्या देठाकडेनूच हळडुवीं, वासाळ आनी ल्हान फुलांचे घोंस येतात. हाका येवपी कळ्यांक खवळे आसता. प्रत्येक फुलांत स पातळ परिदलां णव वा णवापरस उणी केसरदळांची तीन मंडलां आनी वांज केसरदळाचे एक मंडल आसता. परिदलांनी एकावयर एक फळ आसता झाडाच्या सगळ्या भागांत बाष्पनशील (उडून वचपी) तेल आसता.



बोर्निओ (बारूस वा भीमसेनी) कापूर हो ड्रायोबॅलेनॉप्स कॅम्फोरा ह्या झाडापसून काडटात. हो कापूर खूब म्हारग. नागी (ब्युमिया) कापूर ब्युमिया वालसमीफेरा ह्या झाडापसून काडटात. भीमसेनी कापूर उदकापरस जड आसता. भीमसेनी कापूर (Dryobalonops aromatica) झाडाचे घोंलिंतल्यान एकठांय करतात.

सैमीक कापराच्या झाडाक ओली जमीन मानवना, तर रेंवट मिश्रणाची आनी निचऱ्याची जमीन चड मानवता.

२) संश्लेषित कापूर : टर्पेंटाइनांत आशिल्ल्या पायनीन वा बोर्निओल हांच्यापसून कापराचे संश्लेषण करतात. बोर्निओल चड प्रमाणांत मेळन म्हणून पायनिनाचो उपेग करतात. पायनीन हायड्रोक्लोराइडाच्या विहायड्रोहॅलोजनीकरणान (अक्लो हॉलयुक्त अमोनिया आनी ॲनिलीन अशा पदार्थ्यांच्या आदारान हायड्रोजन आनी हॅलोजन गटांतले क्लोरीन, ब्रोमीन, आयोडीन आनी हेर गट काडून उडयल्ल्या प्रक्रियेन) वा पायनिनाच्या उत्प्रेरकीय समघटकिकरणान (विक्रियेंत भाग घेनासतना विक्रियेची वेग वाडोवपी पदार्थाच्या म्हळ्यार उत्प्रेरकाच्या आदारान रेणूंची पुनर्रचना करून नवो पदार्थ मेळोवपी विक्रियेन) एग्ली कॅम्फेन करतात. सल्फ्यूरिक अम्लाच्या सान्निधांत कॅम्फेन आनी ॲसिटिक अम्ल हांची विक्री करून आयसोबोर्निल ॲसिटेट तयार करतात. तशेच कॅम्फेन आनी वसाम्ल (फॅटी ॲसिड्स) हांच्या विक्रेन बोर्निओलाची एस्टरां तयार जातात. अल्कोहॉलयुक्त क्षारीय (अम्लाकडेन विक्री करून लवण दिवपी पदार्थाचे गुणधर्म आशिल्लो) विद्राव आनी बोर्निल ॲसिटेट तापयल्या उपरांत बोर्निओल मेळटा. ताचो

क्रोमिक अम्ल, नायट्रिक अम्ल आदी. उत्प्रेरकांच्या सान्निध्यांत ऑक्सिडीकरणांत कापूर तयार करतात.

संश्लेषित कापूर स्फटिकीकरण, उर्ध्वपातन, संल्पनन हांचेभितर खंयच्याय एका पद्धतीन वा तिनय पद्धतींनी शुद्ध करतात. हो कापूर वखदी, तांत्रीक आनी छायाचित्रण फिल्मांखातीर अशा साबार उपेगांखातीर वेगवेगळ्या प्रतिंचो मेळटा.

उपेग :

घरगुती : मुयो, वायटी, कसर (कपडे खावपी जीव) आनी हेर तत्सम जिवांक पयस धांवडावपाक आनी तांचेपसून धान्य, कपडे आनी हेर वस्तुंचें संरक्षण करपाखातीर कापूर वापरता. कापराच्या वासाक हे जीव लागीं रावनात. अशा जिवांक पयस दवरपाक बाजरांत कापराच्यो गुळयो मेळटात.

वखदी : कापूर हो झाडाचो घोलींत तयार जावपी द्रव्य जाल्ल्यान झाडांची मुळां आनी कांडापसून विशिष्ट प्रक्रियेन मेळिल्ल्या कापराचो उपेग वखदांत जाता. तोंडाक वास मारीत वा तोंडाच्या हेर पिडाचेर थोडोसो कापूर तोंडांत घालून चाबचो. तोंडांची रूच वचप, भूक उणी लागप, परत परत तान लागप हाचेर कापराचो उपेग करूं येता. कापूर पचनशक्त वाडयता. हड्डयांत कफ भरून खोंकली वा धांप मारपाक लागत जाल्यार कापराचो वापर करचो. ताळो बसल्यार ताळो दुखल्यार हाचेर कापराचो वापर केल्यार जाता. कापूर काळजांतली रक्त पुरवण सारकी करता. काळजाची गती कमी जायत वा रक्तदाब कमी जाल्यार कापूराचो उपेग करतात. अशें केल्यार काळजाचें भिसरण सुदारूण गती वाडयता. एखाद्या व्यक्तीक मुतपावेळार, त्रास जाता आसत. एखादे व्यक्तीक जोर येत आसत जाल्यार कापूर घेवचो, घाय येवन जोर येत आसत जाल्यार कापूर घेवचो. घाम येवन येवन जोर देंवपाक मजत जाता. ल्हान भुरग्यांक 'मळ' (दंत) जाल्यार थोडोसो चिमटिभर कापूर गॉडा वांगडा खावपाक दिवचो. खोंकली येवप, ताळो दुखल्यार कापरापसून तयार केल्ली गुळी 'कर्पुरादी वटी' तोंडांत धरून चाबची. कापूर दूख कमी करता म्हूण कापूर घालून तयार केल्लें तेल सांदे दुखींत, कंबर दुखींत, सुजींत (संधीवात, आमवात) सांद्यांक चोळचें. हे वखदी उपाय जाणकाराची बुद्द घेतले बगर करचे न्हीं.

धार्मीक : कापूर गरमेच्या संपर्कांत येतकर तो वितळटा आनी उज्यार दवरतकर पेट घेता. हिंदू धर्मांत देवाच्यो आरती करतात. पयलीं एकारत, पंचारत ह्यो वाती तेलाच्यो आरती जातकच, निमणी कर्पुराती म्हणजे कापूर पेटोवन देवाक आरत दाखयता. एकारत, पंचारत दाखयताना आरती नांवाची भक्तीगितां म्हणटात. कापूराचे आरती वेळार प्रार्थना गीत म्हणटात.

३) वेपारी : आदल्या काळार कापूराचो उपेग धूम्ररहित स्फोटकाचो एक घटक म्हणून करताले, पूण हालिंसारां ताचो उपेग तसो जायना. चडकरून छायाचित्रण आनी चलचित्रण फिल्मांखातीर उपेग करपी सेल्युलोज नायट्रेट प्लास्टिकाच्या निर्मितींत ८० टक्के कापूराचो उपेग करतात. मालागिरी नांवाचो कपडो तयार करताना मेथये वांगडा खोडाचो पिठे करून वापरतात.

– सं. मं.

कापूस : (मराठी : कापूस, हिंदी आनी गुजराती : कपास, कन्नड : हति, संस्कृत : कार्पास, इंग्लीश : कॉटन, लॅटीन : ग्रॉसिपियम)

कापशिणिच्या आनी सावरिच्या झाडापासून मेळपी पीक. हातान स्पर्श जाल्या उपरांत मोव, लवलवीत लागपी एक पीक म्हळ्यार 'कापूस'. संवसाराच्या अर्थीक तशेंच सामाजीक मळावयलें म्हत्वाचें तंतू पीक (Fibre crop). संवसारांतल्या बाजारी पिकांतले कापूस हें सगळ्यांत पोरनें पीक जावन आसा. सांवर आनी कापशीण अशा दोन झाडापासून कापूस मेळटा.

सादारण आठ ते धा मीटर उंचायेच्या झाडाक हळडुव्या रंगाची फुलां घोसांनी फुलतात. हीं फुलां फुलतकच मार्च - एप्रील म्हयन्यांत खुबूच सुंदर दिसतात. केन्ना केन्नाय धव्या आनी जांभळ्या रंगाचींय फुलां फुलतात. हाची पानां सार्दी, हाता आकाराची, ३-९ खंडांनी वेगळायिल्ली, केन्ना अखंड आसतात. ताका लांब सांगो लागतात. ह्या सांगांनी चेपट्यो गुळगुळीत बियो आसतात. आनी त्यो कमी - चड लांबायेच्या



धव्या नाजूक धाग्यांनी विणिल्ल्यो आसतात. हे धागे म्हळ्यारूच कापूस. हे कापशिणिच्या बिंयांक 'सरकी' म्हणटात. हें झाडाक कांटे आसतात. कूळ - माल्वासिये, प्रजाती (Genus). गोसिपियम कापसाचे हे प्रजातींत, जंगली आनी लागवडीच्यो अशो वट्ट दोन जाती आसात. लागवडीचे जातींतल्या कापशिणींत शणवस्त्र (lint) आसता, जाल्यार जंगली जातींतल्या कापशिणींत ल्हान, मोटव्यो आनी गुळगुळीत बियो आसतात. भारतांत ४ जातींची लागवड जाता. १) गॉपिपियम अर्बोरियम, २) गॉसीपियम हर्बोशियम, ३) ळगॉसीपियम हिरसुटम, ४) गॉसीपियम बार्बडेन्स.

१) गॉसीपियम अर्बोरियम : हे जातीक 'देशी कापूस' अशें म्हणटात.

२) गॉसीपियम हर्बोशियम : हेय जातीक 'देशी कापूस' अशें म्हळां.

३) गॉसीपियम हिरसुटम : हे जातीक 'अमेरिकन कापूस' अशें म्हणटात.

४) गॉसीपियम बार्बडेन्स - हे जातीक 'सी आयलंड कॉटन्स' अशेंय म्हणटात.

लांब कणसांचो ईजिप्त आनी अमेरिकेचो कापूस हे जातींत ताचो आस्पाव जाता. कापूस हें उश्ण हवामानांतलें पीक. ह्या पिकाक, बरो विभागून पडपी किमान ५० से. मी. तरी वर्सुकी पावस लागता. चड पावस पडल्यार कापसाचीं बोंडां आनी फुलां झडून पुराय पिकाचो इबाड जावपाची शक्यताय आसता. कडक शिंयाक लागून आनी दंवाक लागून कापशिचीं झाडां मरतात. ज्या जाग्यार भरपूर पावस पडटा अशा हलक्या, रेंवट, मध्यम, गाळाचो आनी चिकण मातयेंत कापसाची लागवड करतात. उदक साचून उरता अशी बऱ्यापैकी सुपीक जमीन कापसाचे लागवडीखातीर वापरतात. कापूस हें खोल जमनींत पाळां - मुळां वचपी पीक आशिल्ल्यान ताची मशागत खोलमेरेन करची पडटा. कपशिणिचे रोंपे बियांपसून किल्लतात. बियो रोवचे पयलीं ताचेर सांद्रीत (Concentrated) सल्फ्युरीक अम्लाचो

फवारो मारतात. अशें केल्यान बियांक रोग जावपाक पावना. कापसाच्या पिकाक जावपी मुखेल रोग म्हळ्यार १) रूट रॉट २) फ्युजेरियम विल्ट ३) अँथ्राक्नोज ४) बॅक्टेरिअल ब्लाइट ५) बॉल रॉट.

१) रूट रॉट : हो रोग, जमनींतल्या कवकाक लागून बियांक जाता. बियांचेर ब्रासिकलचो उपचार करून आनी पिकाची फेरपालट करून ह्या रोगाचेर नियंत्रण दवरूं येता.

२) फ्युजेरियम विल्ट : हो रोग जमनींतल्या कवकाक लागून जाता. देखून असले जमनींत प्रतिरोधक शक्ती आशिल्लो अमेरिकन कापूस लावन आनी पॉटॅश आनी हेर कार्बनी सारें वापरून ह्या रोगाचेर नियंत्रण दवरतात.

३) अँथ्राक्नोज : हो रोग कापसाच्या बियांक आनी बोंडांक जाता. बियांचेर 'ॲग्रोसॅन'चो उपचार करून आनी ब्लायटॉक्स, फायटॉक्स आनी फायटॅलॉन ह्या कवकनाशकांचे फवारे मारून हो रोग आळाबंदा हाडूं येता.

४) बॅक्टेरिअल ब्लाइट : हो रोग पानांक आनी बोंडांक जाता. बियांचेर MEMC आनी ॲग्रिमायसिन हाचो उपचार करून तशेच ब्लायटॉक्स आनी फायटॅलॉन ह्या कवकनाशकांचे फवारे मारून ह्या रोगाचेर नियंत्रण दवरतात.

५) बॉल रॉट : हो रोग बोंडांक जाता. तांबें कवकनाशक आनी कार्बरील जंतुनाशकांचो फवारो मारून हो रोग आळाबंदा हाडटात. कापसाक लागपी किडींच्यो दोन जाती आसात :

१) शेंदरी बोंड किडी (Pink Ballworm)

२) थिपक्यांचो बोंड किडी (Spotted Ballworm)

१) शेंदरी बोंड किडी (Pink Ballworm) ह्यो किडी फुलां, कोमऱ्यो आनी बोंडां खातात. देखून हो किडीचो रोग आळाबंदा हाडपाखातीर बियो रोवचे पयलीं ६० अंश सें. तापमानाची उश्णता दितात वा फॉस्टॉक्सिन रसायनावांगडा मिथिल ब्रोमाइडचो धुंवर दितात.

२) थिपक्यांच्यो बोंड किडी (Spotted Ballworm) : ह्यो किडी कोमऱ्यो आनी बोंडा खातात. जंतुनाशकांचे फवारे मारून ह्या किडींचेर नियंत्रण दवरतात.

हेर वनस्पतीपसून जसो वखदी उपेग जाला तसोच कापशिणिच्या झाडांपसुनूय वखदी उपेग जातात. कापशिणिचें मूळ, साल, फूल तशेंच कापूस आनी ताच्या बियांनी लेगीत वखदी गूण मेळटा. कापसाचीं फुलां फिग्दाचें कार्य सुदारपाक मजत करतात. कामीण सारक्या फिग्दाच्या पिडाचेर फुलांचो रोस काडून पोटांत घेतात. पातळ परसाकडेन जाल्यार पानांचो रोस काडून पोटांत घेतात. बायलांक म्हयन्याचे पाळयेवेळार त्रास जायत जाल्यार कापसाच्या मुळां सालीचो रोस पोटांत घेतात. संधिवात, सांदे दुखींत, तशेंच तकली दुखता आसत जाल्यार कापसाच्या बियांपासून तयार केल्ले तेल लावचें. कान उसळत जाल्यार पानांच्या रोसाचे दोन दोन थेंबे कानांत घालचे. कापसाचो खंयचोय वखदी उपेग करतना दोतोराच्या सल्ल्यान करचो.

कापसाचीं बोंडां एकदम पिकनात. जशीं जशीं पिकतात तशीं तशीं तीं हातान खुटचीं पडटात. तेखातीर कापसाचीं बोंडां पिकतकच दोन – तीन फावटींनी काडचीं पडटात. बोंडा पिकून फुटूंक पावतकच आनी तातुंतल्यान कापूस भायर येवन हुबूंक लागतकच कापसाची बोंडां काडटात. बोंडांतल्यान कापूस काडटकच तो वतांत बरो करून सुकयतात आनी ताचो उपेग करतात. भारतांत जनुकीय सुधारीत

तत्त्वार म्हणजे जैवतंत्रज्ञानाचो उपेग करून बीटी-कापूस तयार करूंक घेतिल्ल्यान ताच्या उत्पादनांत व्हड भर पडल्या.

कापसाचो मुखेल उपेग सुता धागे करपाक जाता. ह्या धाग्यांपासून सुती वस्त्रां तयार करतात. अशीं वस्त्रां पयलीं हातमागाचेर आनी आतां गिरणिंतल्या मशीन मागाचेर करतात. सुताच्या आंगांतल्या शितळसाणिच्या गुणाक लागून सुती कपडे आंगाक थंडसाण दिता. अशे कपडे भलायकेक बरे आशिल्ल्यान कांय लोक बाराय म्हयने सुती कपडे वापरतात. गरमेच्या दिसांनी सुती कपड्यांचो वापर हेचखातीर व्हडा प्रमाणांत जाता. वस्त्र निर्मिती भायर, हॉस्पिटलांनी नितळसाणेखातीर, घरांत देवाच्या पंट्यो आरती आनी हेर दिव्यांच्यो वाती करपाक, नकसूद कंवचेच्या वस्तूंक धपक्यापासून संरक्षण (Packing) दिवपाक कापसाचो उपेग जाता. वस्त्र निर्मिती फाटफाट कापूस, उशीं, गादयो, सोफा सारकिल्ल्या बसकांत मोवसाण हाडपाखातीर वापरतात. कापसाच्या बियांपासून तेल काडटात आनी उरिल्ल्या चोथ्यांक सरकेची पेंड मेळटा. हे पेंडींत नायट्रोजन फोसफोरस आनी पोटेशचो आस्पाव आशिल्ल्यान तें एक बरेंतरेचे सारें म्हणून वापरतात. तशेंच गोरवांची खावड म्हणुनूय ताचो वापर जाता.

सांवरिचो कापूस : सांवर हे एक व्हड आकाराचें झाड. शास्त्रीय नांव सल्मालिया मलबारिका स्कॉट. हें झाड दोंगरांनी तशेंच दोंगराच्या पांयांकडल्या सपाट सुवातिनीं रानवटी झाड म्हणून वाडटा. ह्या कांटेरी झाडाक लांबशी पानां आनी तांबशी फुलां येतात आनी मुखार कापसान भरिल्लीं बोंडा लागतात. हे सांवरिच्या आंगाक कांटे आशिल्ल्यान तिका कांटे सांवर म्हणटात दुसरी कांटे नाशिल्ली सांवर आसता आनी तिका हळडुवीं फुलां येतात. फुलांच्या रंगावयल्यान तिका सोनसावर म्हणटात. कापसाच्या तंतूनीं गुटलायिल्लो बियो बोंडा भितर आसता. तरन्या बोंडाचो रंग पाचवो आनी सुक्या बोंडाचो रंग काळो आसता. बोंडा सुकलीं म्हणटकच तीं रोखडींच काडून घेवचीं आसता ना तर तीं आपशीच फुटून तातूंत तयार जाल्लो कापूस वाऱ्यार हुबून वता. सांवरिच्या बोंडांतलो कापूस (Silk Cotton) हो मुखेलपणान उशीं, गादयो सारकिल्ल्यो वस्तू तयार करपाक वापरता.

– सं. मं.

कापोडयो : (कोळी, मावली, आठ पांयाचो)

आर्थ्रोपोडा (संधिपाद) संघातल्या ॲरॅकिनडा वर्गाच्या ॲरॅनेडा ह्या गणांतलो एक प्राणी. कोळी, मावली, आठ पांयाचो हीं ताचीं आनीक नांवां. जगाच्या सगळ्या भागांनी कापोडयो दिश्टी पडटात. ५,७०० मी. उंचायेर आनी अगगड अश्या फोंडकुलांनय तो रावता. कापोड्याच्यो कांय जाती उदकाचेर आनी उदकापोंदाय रावतात. ताच्यो सुमार ६०,००० च्या वयर जाती आसात.

कापोडयाची लांबाय १ मि. मी. पसून ९ सें.मी. मेरेन आसता. शिरोवक्ष (तकली आनी छाती एकठांय येवपी भाग) आनी पोट अशे शरिराचे दोन भाग आसून बारीक कमरान ते जोडिल्ले आसता. शिरोवक्षाचेर मुखावेल्या भागार आठ दोळे आसतात. चडश्या कापोड्यांमदीं पुस्तक फुफुसाची (पुस्तकाच्या पानांभशेन एकार एक दवरिल्ल्या पातळ पटलिकांनी केल्ल्या आनी एका चिरान भायर उघडपी

फुफुसांची)एक जोडी आनी श्वासनलिकांची एक जोडी अशी दोन प्रकारची श्वसन इंद्रिया आसतात. विश्वग्रंथी शिरोवक्षांत किलर्सिऱ्यांच्या बुडांत आसून विश्व वाहिन्याची बुराक कालिसेयांच्या तोंकार उघडटात कीलीसेरा आनी स्पर्शक (संवेदी उपांगां) हांची एकेक जोडी आनी पांयांच्यो चार जोडयो आसतात.

कापोडयाचे एक लक्षण म्हणजे ताका आसपी तनित्रां (रेशमी धागे तयार करपी इंद्रियां) आसात. हीं नलिका स्वरूपाची आनी पोटाच्या फाटल्या तोंकार आसतात. हांच्यो दोन वा तीन जोडयो आसतात. पोटांतल्या ग्रंथीच्या स्त्रावाकलागून तयार जाल्ल्या गिळगिळीत पदार्थापसून तनित्रांच्या आदारान कापोडयो रेशमी धागो तयार करता. सगळेच कापोडयो ह्या धाग्यापसून भक्ष्य धरपाचे जाळे विणनात. खूब थोडे कापोडये जाळे विणटात. ह्या धाग्याचे आनीक कितलेशेच उपेग जातात. जाळ्यांत अडकल्ल्या भक्ष्याक त्याच धाग्यान ते धरतात. कांय जाती रेशमी घरांत वा ह्या धाग्याचे अस्तर लायिल्ल्या घरांत रावतात. तांतयां दवरपाखातीर ह्या धाग्याचेच कोष तयार केल्ले आसता. शीतसुप्ती (शियांदिसांनीं येवपी गुंगी) आनी कात सोडप ह्यो दोनूय क्रिया ह्या धाग्यांपासून तयार जाल्ल्या रेशमी कट्ट्यांत घडून येतात.



किडो हें कापोडयाचें सर्वसादारण खाण. कांय व्हडले कापोडये ल्हान - ल्हान सुकण्यांक धरपाक शकतात कापोडये वेगवेगळे भशेन आपली भूक भागयता. लांडगो कापशे (वुल्फ स्पायडर) भक्ष्याचो पाठलाग करून धरता. उडक्यो मारपी भक्ष्याच्या आंगार उडक्यो मारून तांकां धरतात. कांय कोळी जाळे विणून तातूंत आपले भक्ष्य धरतात. विखारी किलिर्सेऱ्यानी धरून भक्ष्याक मारतगीर ताच्या आंगांतलो रोस कापडयो ल्हवू ल्हवू शोशून घेता.

कापोडयाच्या आंगार आनी अवयवांचेर आशिल्ले केंस म्हळ्यार ताचीं स्पर्शेंद्रिया आसात.

कांय कापोडये उण्या प्रमाणांत विखारी आसतात. पूण लॅट्रोडेक्टस वंशांतले सगळे कोळी खूब विखारी आशिल्ल्यान मनशाच्या तांचेपासून विखारी उपद्रव जावंक शकता. ह्याच वंशांतल्या 'ब्लॅक विडो' या कापोड्यांच्या दंशान अमेरिकेत दर वर्सा कांय मनशांक मरण येताच.

कापोडयांनी नर आनी मादी हो भेद आसता. मादी नरापरस मोठी आसता. वयार्त आयिल्ल्या नराच्या आंगाच्या निमाण्या खंडाचेर एक फुगीर कसो भाग तयार जाता. तातुंतल्या एका नागमोडी नलिकेंत तो आपले शुक्राणू साठोवन दवरता. ताचे उपरांत मादीक सोदून काडून मैथूनाच्या वेळार साठोवन दवरिल्ल्यो शुक्राणू तिच्या जननरंध्रांत सोडटा. मैथुनाउपरांत नर पळून वता. जर तो मादीच्या हातान सापडलो जाल्यार ती ताका खाता.

धाग्याचे ल्हानशे घोटेर वा कोश तयार कोरून मादी तांतून तांतयां घालता. कांय मादयो हे कोश आपल्या

फाटीर वा पोटार धरून रावतात. साधारणशे १५ दिसांनी तांतयां फुटून पिलां भायर सरतात कांय दीस ती कोशानच रावतात. कांय जातीच्या कापोडयामदीं ती व्हड जातगीर मादीच्या फाटीर रावतात आनी कात काडून ती व्हड जातात.

अन्नाशिवाय कितलेय दीस कापोडयो दीस जगपाक शकता. कारण तांच्या शरिरांत बरेच अन्न साठोवन दवरपाची वेवस्था आसता.

उदकांपोंदच्या वनस्पतीचेर जाळे विणून थंय रावपी कापोडयाची एक जात युरोप आनी आशियाखंडांत मेळटा. हे कापोडये उदकावयर येवन हवेचे बुडबुडे, आंगांर घेवन, ते आपल्या उदकापोंदच्या जाळ्यांत दवरता.

– सं. मं.

काफी (कॉफी) : 'कॅफीइन' ह्या अल्कलॉइडाक लागून तरतरी हाडपी, खाशेली रूच आशिल्लें, भाजिल्लें काफयेच्या बियांपसून तयार केल्लें एक पेय. ह्यो बियो रूबिएसी कुळांतल्या 'कॉफीया' वंशांतल्या ल्हान रोप्यांपसून मेळटात काफयेक तुर्की भाशेंत 'काहवेह' (kahveh) म्हणटात. ताचेवेल्यान अरबी 'काहवाह' (Qawah, Kahwah) आनी ह्या 'काहवाह' चो कॉफी (काफी) म्हळ्यार अरबी मद्य अशा अर्थान इंग्लिशींत अपभ्रंश जाला आसूंक जाय, अशें म्हणटात. कांय जाणकारांच्या मताप्रमाण इथिओपियांतल्या (ॲबिसिनिया) 'काफ्फा' (Kaffa) ह्या काफयेच्या जल्मगांवाचें नाव तिका मेळ्ळां आसूंक जाय.

'काफेया आराबिका'हे काफ्रयेच्या ल्हान रोप्यांक सावळी खूब मानवता. ह्या रोप्यांची उंचाय सुमार २ ते ३ मी. आसता. ६ ते ७ मी. उंच वाडपी कांय काफयेच्यो जाती आसात. तांची सामानय लक्षणां 'रूबिएसी' कुळांत वर्णिल्लेप्रमाण आसतात. पानां गाड पाचवीं आनी सुळसुळीत आसून एकमेकासामकार आसतात. ह्या रोप्यांक वर्सूयभर पानां आसतात. जानेवारी ते एप्रील म्हयन्यांत काफयेच्या रोप्यांक ल्हान, धवीं आनी वासाचीं फुलां येतात. काफयेच्या रोप्यांक पाचव्या रंगाचें बारीक फळ येता जें पिकतकच हळडुवें, जांबळें आनी निमाणें तांबशें जाता. ह्या फळांचीं लांबाय सुमार १.५ मि. मी. आसता. फळाभितरल्या बुळबुळीत गरांत दोन पाचव्या वा गोबरा रंगाच्यो बियो आसतात. ह्या बियां भोंवतणी पातळ साल गुठलायिल्ली आसता आनी ताचे भोंवतणी एक काथ्याभशेन साल आसता. ह्याच बियांपसून काफी तयार करतात.

जगभर लागवडिखातीर वापरांत आशिल्ल्यो कांय काफयेचो जाती आसात त्यो अशोः

१) कॉफिया आराबिका २) कॉफिया रोबुस्ता ३) कॉफिया स्टेनोफायला ४) कॉफिया लायबेरिया

१) कॉफिया आराबिका :

हिच्या पोटजातीच्या चिक्स, कूर्ग आनी केंट्स ह्या प्रकारांची लागवड भारतांत जाता. कर्नाटकांतल्या चिकमंगळूर भागांत लागवडींत आशिल्ल्या आराबिकाच्या प्रकारांत 'चिक्स' हें नांव दिलां.

२) कॉफिया रोबुस्ता : बेल्जियम कॉंगो आनी जावा हांगासांवन हे जातीचो भारतांत प्रवेश जाला आसूंक जाय. काफयेच्या फळांतल्या दोन बियांचेर पातळ आनी चिवट कागदाभशेन आशिल्ली साल काडून ज्यो बियो उरतात, त्यो भाजून काफी तयार करतात. बियांवयली साल दोन पद्धतींनी काडटात. १) सुकी पद्धत आनी २) ओली पद्धत

१) सुकी पद्धत : हे पद्धतींत फळां पिकतकच काडटात आनी बीं वतांत सुकयतात. ह्यो सुकिल्ल्यो बियो फातराच्या वा लाकडाच्या खलबत्यांत धोडावन सालींपसून मेकळ्यो करतात, जाका चेरी वा थळावी (Native) काफी अशें म्हणटात.

२) ओली पद्धत : हे पद्धतींत पिकिल्लीं, तांबश्या रंगाचीं फळां वेचून घेतात आनी एका खाशेल्या यंत्रान तांच्यावयल्यो साली काडटात. उपरांत गर आंबोवन (Fermentation) वयलें आवरण काडटात. ही प्रक्रिया करपाक वेगवेगळ्यो टांकयो आसतात. आनी ताका सादारणपणान बारा वरां लागतात. मागीर ह्यो बियो धुतात आनी सुमार सात दीस वतांत सुकयतात. अशें हें सुकयल्लें बीं यंत्राच्या आदारान ताच्यावयल्या पातळ सालींपसून मेकळें करतात. हे पद्धतीन तयार केल्ले काफयेक 'पार्चमेंट काफी' अशें म्हणटात. हे पद्धतीन तयार केल्ली काफी उंच पांवड्याची आसता आनी तिचें मोलूय चड आसता.

३) कॉफिया स्टेनोफायला : मूळस्थान अस्तंत आफ्रिकेतलें सिएर्रा लिओने

४) कॉफिया लायबेरिया : हें जातीचें झाड खूब उंच म्हळ्यार सुमार १२ ते १५ मी. वाडटा.

ह्या पिकाक उश्ण, दमट आनी सुकें हवामान लागता. ते ९००-१८०० मी. उंचायेच्या वाठारांत काफयेचें पीक बरेतरेन जाता. ह्या झाडाक तांबडी वा 'लेटरायटिक' आनी निचऱ्याची जमीन लागता. काफयेचे रापें रोवचेपयलीं मातयेंत कुशिल्लें शेणखत, रेंव आनी चुनो घालून वाफे तयार करतात. वाफ्याची उंचाय १५ सें. मी. आसता डिसेंबर ते जानेवारी म्हयन्यांत बियांक 'अॅग्रोसान' हें चित्याआड वखद चोळून उपरांत १.५-२.५ सें. मी. अंतर दवरून बीं रोयतात. ४५ दिसांनीं हें बीं किल्लून येता. जून म्हयन्याचे सुरवेक हें रोपें देड ते दोन फूट फोंड खणून तातूंत रोयतात. रोप्यांक तेंको दिवपाखातीर धिगी लायतात. काफयेचे वनस्पतीक सावळी जाय पडटा. देखून, रोप्यां भोंवतणी कमी उंचायेचीं हेर झाडां लायतात. हाकालागून नडणी, हातांनी नाजाल्यार वखदां मारून काडटात. काफयेच्या रोप्यांक नत्र, स्फुरंद आनी पालाश हीं रसायनीक सारीं फाव त्या प्रमाणांत वेळचेवेळार दितात. काफयेचें बीं तयार जातकच तें तव्यार, पत्र्यार वा घुंवपी यंत्राच्या आदारान, जतनायेन भाजतात आनी रोकडेंच दळपाक व्हरतात. काफयेचो पांवडो तिच्या रंगार, वासार थारायतात आनी तेप्रमाण प्रत लायतात. काफयेच्या पिकांक लागपी मुखेल रोग अशें आसात : १) कॉफी लिफ रस्ट, २) ब्लॅक रॉट, ३) बेरी ब्लोच, ४) ब्राऊन आय स्पॉट.

१) कॉफी लिफ रस्ट (Coffee Leaf rust) : ह्या रोगाक लागून पानांचेर दाग पडटात आनी पानां झडूंक लागतात. हो रोग आळाबंदा हाडपाक फुलां येवचेपयलीं, पावसापयलीं आनी पावस सोंपतकच अशें तीन खेपे बोर्दो मिश्रण झाडाचेर फवारतात.

२) ब्लॅक रॉट (Black rot) : ह्या रोगाक लागून रोप्यांचीं पानां काळीं पडून कुसतात. ताचेर आळाबंदा हाडपाखातीर रोप्यांक फाव ती सावळी दिवन रोगट भाग कापून उडोवन बोर्दो मिश्रणाचो फवारो मारतात.

३) बेरी ब्लोच (berry Blotch) : ह्या रोगाक लागून काफयेच्या फळाचेर बारीक खतां पडटात आनी फळां सुकतात वा कुसपाक लागतात. हो रोग आळाबंदा हाडपाक रोप्यांचेर बोर्दो मिश्रण फवारतात.

४) ब्राउन आय स्पॉट (Brown eye spot)

: ह्या रोगाक लागून काफयेच्या रोप्यांच्या पानांचेर वाटकुळीं खतां पडटात आनी पानांच्यो कडो चॉकलेट जावन पानां झडपाक लागतात. देखून ह्या ल्हान रोप्याचेर बोर्दो मिश्रण फवारतात.

काफयेच्या रोप्यांक किडींचो खुबूच त्रास जाता. तातुंतल्यो कांय किडी आनी तांचेवयले उपाय अशें आसात.

१) शूट आनी रूट मिली बग (Shoot and root mealy bug) : ही कीड पानांची कोमरी खाता आनी पानांतलो रोस ओडून घेता

२) ग्रीन बग (Green bug) : हे किडीक लागून काफयेचीं पानां कवळटात, कोमरी काळी पडटा आनी फळांचेर बुरशी वाडटा.

३) कुसां कीड (Hairy caterpillar) : पानां खावन उडयतात. ह्या तिनूय किडींक लागून तशेंच (brown bug) हे किडीपसून जावपी पिडा पयस करपाखातीर १.५% इकालक्स वा ५% मॅलाथिसोन पिठो मारतात. तेचपरी ५०० मिली इकालक्स वा २०० मिली फोलीथीयोन वा २०० मिली लेबासीड हीं वखदां रोप्यांचेर फवारतात.

भारतांत काफयेची पिकावळ कर्नाटक, केरळ, आसाम, तमिळनाडू, आंध्रप्रदेश, ओरिसा, महाराष्ट्र, मध्यप्रदेश आनी अंदमान जुंवो ह्या वाठारांत जाता. गोंयांत कांय थोड्या सुवातिंनी काफयेची लागवड करतात. पूण वेपारी नदरेन तिचें उत्पादन जायना.

काफयेंत सापडपी 'कॅफीन' ह्या द्रव्याक लागून काफी पियेतकच तरतरी येतातूच पूण चड प्रमाणांत काफयेचो वापर केल्यार तातुंतल्या 'कॉफिटोक्सीन' ह्या रसायनाक लागून पोटांत बिघाड जावपाची शक्यता आसता.

काफयेपसून कांय प्रमाणांत तेल तशेंच मेण करपाखातीर वापर करतात. काफयेच्या बियांपसून 'कॅफेलायट' हें नवें तरेचें प्लास्टीक तयार करतात. काफयेंच्या झाडाच्या लाकडांपसून रोदां, तुतयाचे दांडे ह्यो सारक्यो वस्तू तयार करतात. केंस पिकल्या उपरांत केसांक तांबडो रंग येवपाखातीर मेथयेंत कॉफीचो पिठोय कालयतात आनी केंसांक लायतात.

काफयेचो चडसो वापर हो चायेचें पर्यायी पेय म्हणून जाता आसलो, तरी कांयजाण च्या न घेता काफीच घेवपी आसात. काफी, दूद, साखर घालून वा दुदाबगर फुटी (खुटी) काफीय पितात. गरम काफी तशें थंड काफीय पितात. काफीची रूच दिवपी चॉकलेटी बाजारांत उपलब्ध आसात. आदल्या काळांत कुळागारांनी काफयेची झाडां लायताले. तांचेर जावपी काफयेच्या फळांतल्यो बियों भाजून दात्यांत भडून तांचो पिठो करताले. आनी हो पिठो उदकांत शिजोवन काफी तयार करताले. आतां काफयेचो पिठो तयार अवस्थेंत बाजारांत उपलब्ध आशिल्ल्यान, घरांत काफयेचो पिठो करपाची पद्दत फाटीं पडल्या.

– सं. मं.

काब्राल, आउगुश्तु : (जल्मः?)

गोंयकार क्रिस्ती धर्म फुडारी. वेर्णे हो तांचो मूळ गांव. धर्मीक शिक्षण घेतल्या उपरांत तो राशोल सेमिनारींत शिकोवंक लागलो. फुडें तो बेळगांवांच्या वाठाराच्या डायोसिजीचो व्हिकार जनरल (Vicar General) जालो. बिशप फोर्तुनांतू बेयग कुतिन्यु हाच्या मरणा उपरांत १८६७ वर्सा तो डायोसिजीचो कारभार पळोवंक लागलो.

– सं. मं.

काब्राल, मोहना (मिस मोहना) : (जल्म : १९३०, मुंबय; मरण : ११ सप्टेंबर १९९०, फ्रांस)

नामनेची गोंयकार कलाकार, तिका 'मिस मोहना' म्हूण वळखतात. ती मूळ पर्वरी – बारदेस ह्या गांवची. पूण तिचो आवय – बापूय मुंबय वचून स्थायीक जाल्लो. गोड आवाज, सुंदर रूप आनी कलेची आवड ही जल्मजात देणची तिका मेळिल्ली. तिचें हें गूण नामनेचो तियात्रिस्त सी. आल्वारीस हाणें पारखिले आनी तिका पयले खेप माचयेर उबी केली.

१९५० वर्सा सी. आल्वारीस हाचो पयलो तियात्र 'आवयचें कर्तूप' हातूंत तिणें धुवेचें सवंग घेतिल्लें. ह्या तियात्रावरवीं तिका खूब नामनां मेळ्ळी.

१९४० वर्सा 'अफघान स्नो ब्युटी' सर्तीत तिका 'मिस बाँबे' म्हूण वेंचून कडली. सिनेमांत प्रवेश करपाक हो भोवमान तिका कारणीभूत जालो. 'सावन आया रे', 'पतंग', 'संसार', 'रिम – झिम', 'इन्सानियत', 'नगिना' आनी हेर कितल्याशाच हिंदी सिनेमांनी कामां करून चित्रपटाच्या मळार तिणें आपलें नांव जोडलें. उपरांत तिणें नर्गीस दत्तान निर्मिल्ल्या 'मेहंदी' बोलपटांत केल्ली विनोदी भुमिका आनी 'इन्सानियत' बोलपटांत केल्ली भुमिका खूब गाजली. अभिनया वांगडाच आवाजाची देण मेळिल्ल्यान गावपांतूय तिणें नांव जोडलें. 'रिमझीम' सिनेमांत तिणें गायिल्लें गीत खासा तिच्याच आवाजान रिकॉर्ड केल्लें आसा. 'मडकेंतलो नीस', 'मोगाळ म्हज्या भयणांनो', 'मोगाळ म्हज्या भावा', 'आरोसिना वांगडा', 'आशिर्वाद दी', 'आई', 'काळजाक म्हज्या पेटला उजो', 'सून' हीं तिचीं रिकॉर्डींच्या रूपांत आशिल्लीं कोंकणी गीतां.

गायनाच्या, तियात्राच्या आनी सिनेमाच्या मळार तिका एक आगळीच नामना मेळ्ळ्या. बैरूतच्या दूरदर्शन केंद्रांत ती अखेरमेरेन कलाकार म्हूण वावुरली.

– सं. मं.

काब – दी – राम (खोल गड) : एक इतिहासीक किल्लो. थळावे लोक 'रामाचे भूशीर' अशें म्हणटात. तेंच नांव पोर्तुगिजांनी पोर्तुगिजांतल्यान फुडें तशेंच चालंत दवरलें आनी आयजूय पोर्तुगीज नांवान हो भाग आनी किल्लो वळखतात. पूण किल्ल्याचें खरें नांव 'खोलगड.'

'खोलगड' म्हळ्यारूच 'काबु – दी – राम' हो दक्षीण गोंयांतल्या काणकोण तालुक्यांतलो खोल ह्या गांवांत दर्यादेगेर वशिल्लो किल्लो आसा. दर्यांत भितर शिरिल्लो जमनीचो भाग वा भुशीर असो काबु – दी – राम ह्या पोर्तुगीज शब्दाचो अर्थ. खोल गांवांत हो किल्लो आशिल्यान ताका खोलगड अशें नांव पडलां. पोरण्या कागदपत्रांनी खोलगड ह्याच



नांवान वळखतात अशें दिसून येता. ह्या किल्ल्याचे भोंवडेक येवपाखातीर दोन मुखेल मार्ग आसात. एक मार्ग मडगांव असोळणे, बेतूलमार्ग खोल वा काणकोण आगोंदमार्ग खोल. खोल हो एक पाचवेंचार झाडांनी भरिल्ली असो निसर्गमय सुंदर गांव. खोल ह्या नांवांतूच गांवचो भुगोलीक वर्णन आसा. आग्नेय दिकेकडल्यान सह्याद्रीच्या मुखेल दोंगरांतल्यान एक फांटो घाटमाथ्यावयल्यान नडगे ह्या गांवांतल्यान खोतीगांव अभयारण्याच्या शिमेवयल्यान काणकोण चावडिच्या लागशिल्लो करमलघाट मार्गूय खोल ह्या गांवांतल्यान दर्यांत वता. किल्ल्याचे दार पूर्व दिकेक आसा. किल्ल्यांत भीतर सरतनाच एक पोरनी बंदखण, इगर्ज, तशीच किल्ल्याभितर भरपूर सुवात आसा. आतां थंय फकत बांदूच दिश्टी पडटा. किल्ल्याच्या तळाक माड, आंब्याचें कुळागर आनी फुडल्यान अरबी समुद्र, उत्तरेक कोलवा बाणावलेची वेळ तर दक्षिणेक दोंगराची माळ दिश्टी पडटा. किल्ल्याच्या फुडलेवटेन पोर्तुगीज बांदकामाच्यो कांय कुरवो दिसता. हो गड कोणें बांदलो हे विशीं एकमत ना. देवगिरीचे यादवराजे, शिवाजी महाराज, आदिलशहा, सौंदेकार अशा जायते जाणांची नांवां घेतात पूण नक्की पुरावो मेळना.

१६८५ ते खोलगड सौंदेकाराकडेन आयलो आनी १७०८ त छत्रपती शाहुकडेन करार करून दरवर्सा २५ हजार होन दिवपाच्या बदल्यांत सौंदेकाराक जो भाग मेळलो तातूंत खोलगडाचो आस्पाव आसलो. ह्या गडाचो उपेग दर्यावयल्या जहाजांचेर लक्ष दवरपाक आनी बंदखण म्हणून करताले. १७८० त सौंदेकाराचें खोलगड मेरेनचें राज्य हैदर अलीन ताब्यांत घेतले. सौंदेकार पोर्तुगिजांच्या आसऱ्याक आयलो ताचें बदलाक पोर्तुगिजांनी सौंदेकाराचो काणकोण मेरेनचो प्रदेश आपल्या ताब्यांत घेतलो आनी अशें तरेन हो गड पोर्तुगिजांच्या ताब्यांत आयलो. पोर्तुगिजांनी ह्या गडाचो उपेग बंदखण म्हूण केलो आनी भितर एक इगर्ज बांदली.

सद्याक ह्या गडाचें रुपांतर पर्यटन स्थळ म्हणून विकसीत करपाक कांय आस्थापनां मुखार सरल्यात, ताका थळाव्या लोकांचो, पर्यावरणीय नदरेन, विरोध आसा.

– सं. मं.

काबू निवास : पळयात : राजभवन

कामत, अनंत विठ्ठल गोपाळकृष्ण (ए. जी. कामत) : (जल्म ९.४.१९३४, कासरकोड, कर्नाटक)

एक नाट्यकलाकार. साबार कोंकणी आनी कन्नड नाटकांत अभिनय, दिग्दर्शन तशें लेखन करून नाट्यमळाचेर नामनां जोडल्या. ताणें मुंबय आसताना १९७२ त, वडाळा (मुंबय) हांगा ''ब्रह्मगांटि'' हें पयलें नाटक बरोवन थंयच्या सार्वजनीक गणेशोत्सवांत सादर केलें. कोंकणी भाशेची उदरगत बरीतरेन नाटकावरवीं सादूंक शकतली हो विचार घेवन ताणें मुंबयत 'प्रगति फ्रेंडस् सर्कल' संस्था स्थापन करून कोंकणी नाटक लोकप्रिय करपाचो वावर महाराष्ट्र, कर्नाटक, गुजरात, गोंय प्रदेशांत केलो. ताणें १२ नाटकां आनी १७ एकांकिका बरयल्यात. तातूंत 'ब्रह्मगांठी', 'सर्वेजनांकायनमाश्रयतें होडपणाचें सुख – शृद्धा भक्ती विस्वास', 'साक्षात्कार', 'स्वार्त देवोभव', 'वासुदेव नायकाली गुंडागुंडी', 'कालाक तक्क मेळू', 'मुस बऱ्यांतुलो मार', 'युक्ती', ही नाटकां आनी 'उतचेल्यानुं जागृत जाय्या', 'विस्त्रा – विसरी', 'सादृश्ट रामायणं', 'होस्पिटल दर्शन', 'हरी मामाली फजिती', 'चारी बायला एकत्र' मेळ्यारी कामत मेचिंग सेंटर' ह्यो एकांकी आस्पावता.

ताणें सुमार पाऊणशें नाटकांनी अभिनय केला. सुमार पन्नास नाटकांचे दिग्दर्शन केलां. ताणें सादर केल्ल्या कोंकणी आनी कन्नड नाटकांचे सुमार अडेचशें प्रयोग जाल्यात.

ताणें नाटकाच्या मळार केल्ल्या वावराखातीर ताका वडाळाच्या सार्वजनीक गणेशोत्सवांत सलग तीन वर्सां उत्कृश्ट नाटककार, दिग्दर्शक आनी नट म्हणून मान प्राप्त जाला. बेंगळुरांत जावपी अम्मेंबल नारायण पै, नाटक महोत्सवांत सलग तीन वर्सां ताणें सादर केल्ल्या नाटकांक सर्वश्रेष्ठ पुरस्कार लाबल्यात. ताका ताच्या ह्या वावरांत ताची घरकान्न श्रीमती रमाबाय आनी नामनेचे नाटककार बैंदूर देवराय अयगळ हाचो भोव आदार मेळला.

कर्नाटक विश्वविद्यालयांतल्यान विज्ञान शाखेचे पदवीधर आशिल्ले ए. जी. कामत हो इंडियन ऑक्सिजन संस्थेंतल्यान सिनियर सेल्स एक्झिक्युटीव म्हणून १९९४ त निवृत्त जाल्यात.

– सं.मं.

कामत, अशोक : (जल्म : ३ डिसेंबर १९४०, मडकय, फोंडें, गोंय)

कोंकणींतलो एक म्हालगडो लेखक आनी संघटक. ताचें मुळावें शिक्षण मडकय जालें. उप्रांतचें माध्यमीक शिक्षण, कुडचडें (गोंय) हांगच्या 'न्यू एज्यूकेशनल इन्स्टीट्यूट' हे संस्थेंत जालें. ताणें प्रयाग विद्यापिठाची हिंदी साहित्य विशारद पदवी घेतली.

ताणें शिक्षकी वेवसाय केलो. कुडचडच्या सर्वोदय एज्यूकेशनल सोसायटीच्या हायस्कुलांत (१९६४ ते २०००) पयली शिक्षक आनी उप्रांत हेडमास्तर म्हणून निवृत्त जाय मेरेन काम केलें.

ताणें एकांकी, नाटक, कथा आनी कादंबरी ह्या साहित्य प्रकारांतल्या कोंकणी साहित्यांत मोलाची भर घाली. तेभायर ताणें कविता आनी बालसाहित्यय बरयलां. ताणें बरयल्लें साहित्य अशें आसा :

एकांकी : 'म्हजी भूंय म्हजो मोग' (१९६९) 'अशोकांची,' 'कोण कोणाचो न्ही.'

नाटक : 'बंदखणिची देवळां जालीं,' 'एक सांज अमुरपिकी'

कथा : अशोककथा'



कादंबरी : 'घणाघाय नियतिचे' (२००५), 'जुवारिचीं पांयजणां' (२०१०)

कविता : 'जिवीत बिंबा' (२००३)

बालसाहित्य : 'सूर्यपूत सुभाष' ताणें 'कोंकणी – कोण कोणाचो.' हे गोवा कोंकणी अकादमी प्रकाशीत कोंकणी लेखक कलाकार शिक्षक आनी संस्थांचे डिरेक्टरिचें संकलन केलां.

ताका 'घणाघाय नियतिचे' हे कादंबरी खातीर २००८ वर्साचो केंद्रीय साहित्य अकादमीचो पुरस्कार फाव जाला. तेभायर ताका जनगंगा साहित्य पुरस्कार, कोंकणी भाशा मंडळ साहित्य पुरस्कार, कला अकादमी साहित्य पुरस्कार, टी. एम्. पै फावंडेशन साहित्य पुरस्कार आनी कोंकणी भाशा मंडळाचो शिक्षक पुरस्कार आनी गोंय सरकाराचो कला गौरव पुरस्कार मेळला.

राज्य शिक्षण संस्था पाठ्यक्रम समितीचेर ताणें काम केलां. तशेंच जायत्या शिक्षणीक उपक्रमांनीं योगदान दिला.

तो अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या, अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलनाच्या, कुडचडें – गोंय हांगा जाल्ल्या अठराव्या अधिवेशनाचो स्वागताध्यक्ष आसलो.

– सं. मं.

कामत, गोपाळ आपा : (जल्म : २२ जुलय १९१७, सांखळी – दिवचल, गोंय; मरण : २ एप्रील १९९०, पणजी गोंय)

गोंयचे सुटके झुजारी, ताणें पोर्तुगेज उच्च शिक्षण पणजेच्या लिसेवांत सातवे वर्सा मेरेन घेतलें. पोर्तुगेज कायद्याची पदविका घेवन तो वकील जालो.

१९४६ ह्या वर्सा, डिसेंबर म्हयन्यांत गोंयाखातीर खास खास राजकी दर्जाविशीं उलोवणी करपाक पोर्तुगेज सरकारान एक कमिटी नेमिल्ली. ह्या कमिटींत, कामत हाची नेमणूक गव्हर्नर जनरल बॉस हाणें केल्ली. पूण ताचें राष्ट्रवादी विचारसरणेक लागून ताका दुबावान पळोवंक लागले, म्हूण १९४७ आनी १९५२ वर्सां दोन खेपे ताची चवकशी जाली.

१ जून १९५४ ह्या दिसा 'राष्ट्रीय काँग्रेस गोंय' संघटनेचे सावंतवाडी वाठारांतल्या बसकेंत, संघटनेचे

कार्यकारी कमिटीचो वांगडी म्हूण ताका वेंचून काडिल्लो. तशेंच ह्या संघटनेच्या फुडल्या कार्याची आंखणी करपाखातीर परत एकदां बसका जाल्ली. तेन्नाय संघटनेचे मध्यवर्ती कमिटीचो अध्यक्ष म्हण ताका वेंचून काडिल्लो.

डॉ. टी. बी. कुन्हा, पीटर आल्वारीस आनी डॉ. पुंडलीक गायतोंडे ह्या सुटकेझुजाऱ्यांच्या मार्गदर्शनाखाला ताणें सुटके झुजाचो वावर केलो. त्या काळांत तो राजकीय कैद्यांच्यो केसी चलयतालो.

३० जून १९५४ ह्या दिसा स्वातंत्र्य चवळींनी वांटो घेता, ह्या आरोपाखाला पोर्तुगेज पोलिसांनी ताका अटक करून पोर्तुगेज सरकाराच्या प्रादेशीक लश्करी न्यायालयांत चवकशी जाली आनी फुडें ५ जुलय १९५५ दिसा न्यायालयान ताका १० वर्सां खर बंदखणिची ख्यास्त फर्मायली. तशेंच दर दिसाक ताका वीस इस्कूद (पोर्तुगेज चलन) हे प्रमाण दोन वर्सां दंड भरुंक लायलो. आनी १५ वर्सांखातीर ताचे राजकी हक्क काडून घेतले आनी न्यायालयांत वचपाचीय बंदी घातली.

१५ ऑगस्ट १९५९ ह्या दिसा ताची सुटका जाली. २० जून, १९६१ दिसा, पोलिसांनी ताका गोंयाखातीर स्वायत्ततेचे मागणेची येवजण केल्ली म्हण परतो धरलो. तेन्ना ताचेच वांगडा आशिल्ल्या 'ब्लिटझ्' ह्या इंग्लीश नेमाळ्याचो पत्रकार श्रीधर तेलकर हाकाय अटक केली. मुखार ९ ऑक्टोबर १९६१ दिसा ताची बंदखणिंतल्यान सुटका जाली. गोंय सुटके उपरांत १९६७ ते १९७२ ह्या काळांत तो गोंय विधानसभेचो सभापती आसलो.

१९७२ वर्सा भारत सरकारान ताम्रपत्र दिवन ताचो भोवमान केलो. तशेंच १८ जून १९८२ ह्या दिसा. गोंय सरकारान सुटके झुजांतल्या ताच्या वावराचे भोवमान केलो.

– सं. मं.

कामत, जनार्दन विष्णू (जनाप्पा) : (जल्म : २१ डिसेंबर १८८६ केपें, गोंय; मरण : २ नोव्हेंबर १९६५, मुंबय)

एक गोंयचो समाजसेवक आनी मराठी लेखक. ताच्या बापायचें नांव विष्णू विठ्ठल कामत. जनार्दन कामत, हाका 'जनप्पा' ह्याच नांवान लोक चड वळखताले.

जनाप्पान, आपलें मराठी शिक्षण गांवच्या गांवांतच बरोवपा – वचपापुरतें घेतलें. आनी पोर्तुगेजिंतल्यान सेगुंदग्रावांची परिक्षा दिली. इतलेंच शिकून सुद्धा ताणें आपल्या स्वताच्या बुद्धीन दोनूय भाशेंचे ज्ञान आत्मसात केलें आनी आपल्या विशिश्ट अश्या शैलीन व्याख्यानां, भाशणां दिलीं.'

ख्रिस्ती धर्मप्रदेशकांच्या सांगणेवेल्यान पोर्तुगेजांनी चंद्रेश्वर देवाच्या शिगम्याचेर बंदी घाल्ली. ताचें आड कारवाय करपाखातीर ताणें पोर्तुगेज कायद्याचो आनी राजवेवस्थेचो पुराय अभ्यास केल्लो.

पिरायेच्या २० व्या वर्सा, १ जानेवारी १९०७ दिसा, जनाप्पान, केपें तालुक्यांतल्या पाड्डे वाठारांत 'पारोडे मराठी ग्रथसंग्रहालय' नांवाच्या संस्थेन आपल्या भौशीक वावराची सुरवात केली.

१९२० वर्सा ताणें अस्पृश्यतेचें निर्मुलन क... आनी सोऱ्याचेर बंदी घालची अशे लेख बर... व्याख्यानां दिवन तळमळीन वावर केलो. १९२८ व... मसुराश्रमाच्या प्रेरणेन गोंयांत १० हजार किरिस्तांव गावड्यांचे जें शुध्दिकरण जाल्लें तातूंत ताचो व्हड

वांटो आसलो. १९४६ वर्साचे सुटके चळवळींत वांटो घेतिल्ल्या झुजाऱ्यांचे खटले चलोवपाक जनाप्पा वकिलांक आदार दितालो. १९४७ मेरेन गोंयांत ज्यो – ज्यो कार्यावेळी जाताल्यो तातूंत भाग घेवन, ताणें आपलो वावर बरोच मुखार व्हेलो.

१९४९ वर्सा, ताका धरपाचें पोलिसांनी फर्मान काडलां हे कळून तो बेळगांवां वचून लिपलो आनी थंयच्यान मुंबय गेलो. १९४९ ते १९६४ ही निमाणीं १५ वर्सां मुंबयत रावण ताणें समाजीक, राजकीय, सांस्कृतीक आनी साहित्यीक वावर केलो. गोमंतक मराठी साहित्य संमेलनाच्या गोंयांभायर जाल्ल्या संमेलनांचो ताणें १९५२ त मुंबय अधिवेशनाच्या संमेलनांत तो स्वागताध्यक्ष आसलो. डिसेंबर १९४७ त पुण्यांत 'गोमंतक मराठी संमेलन' भरिल्लें तातूंत 'नागरी असहकार चळवळीक' संमेलनाचो तेंको मेळचो म्हूण ताणें यत्न केल्लो.

१९५४ वर्सा दादरा आनी नगर हवेलीच्या सुटके झुजाखातीर तो वावुरलो. तशेंच त्याच वर्सा श्री. बा. द. सातोस्कार हाच्या संपादनाखाला भायर सरपी 'दूधसागर' नेमाळ्यांत ताणें लोकजागृताय हाडपाक लेख बरोवन ताणें सुमार ८ वर्सां काम केलें. हातून ताच्या 'सत्तरीतील पन्नाशी' ह्या आत्मवृत्तेचो पयलो भाग प्रसिद्ध जालो आनी 'गोमंतकातील ग्रामसंस्था' ह्या विशयावेलें एक पुस्तकय बरयलें.

जनाप्पा, एक खर राष्ट्रवादी आसलो. तेचपरी 'भारतीय राष्ट्रीय काँग्रेस' हे संघटनेचो तो अनुयायी आसलो.

भारत देशांत चलिल्ल्या स्वदेशी चळवळिचो ताचेर प्रभाव पडिल्लो आनी तेंको दिवपाखातीर ताणें साकर परदेशांतल्यान येता म्हूण साकर खावपाचें सोडून दिवन साकरेच्या जाग्यार गॉड खावंक लागलो.

पिरायेच्या ७० वर्सांच्या सुवाळ्या निमत्तान गोकर्णपर्तगाळ मठाधीश श्रीमद्‌द्वारकानाथतीर्थ स्वामीजीनी संस्थानावतीन 'समाजसेवक' ही पदवी दिवन ताचो भोवमान केलो.

– सं. मं.

कामत, दिगंबर : (जल्म : ८ मार्च १९५४, मडगांव – गोंय).

गोंय राज्याचो मुखेलमंत्री आनी एक कलाप्रिय व्यक्ती. ताचें भुरगेंपण आकें (मडगांव – गोंय) हांगा सरलें. हांगच्या दामोदर विद्यालयांत ताणें प्राथमीक शिक्षण घेतलें. माध्यमीक शिक्षण सदानंद जांबालीकराचे शाळेंत (पांचवी ते आठवी) आनी उप्रांत भाटीकर (मॉडेल) हायस्कुलांत एस. एस. सी. मेरेन शिक्षण घेतलें. मडगांवच्या श्रीमती पार्वताबाई चौगुले म्हाविद्यालयांतल्यान विज्ञान शाखेंतली पदवी १९७३ त ताणें घेतली. ताचें आवयचें नांव राधाबाय आनी घरकान्नीचें नांव आशा.

पदवी घेतलेउप्रांत ताणें आपल्या बापायच्या नाल्ल – खरेदी – विक्री वेवसायांत लक्ष घालें. १९७९ त ताचें लग्न जालें. उप्रांत भागीदारी तत्वार १९८० त

बांदकाम वेवसाय सुरू केलो. शाळा - कॉलेजींत आसतानाच ताका सामाजीक - सार्वजनीक कामाची आवड आनी सवंय जाल्ली. हाका लागून मडगांवच्या साबार संस्थांनी ताणें सामाजीक, शिक्षणीक, सांस्कृतीक वावर केलो. आजय तो सार्वजनीक वावरांत सक्रीय आसा.

रोटरॅक्ट क्लबचो मडगांव चार्टर अध्यक्ष (१९७४), अॅग्रीकल्चर मार्केट प्रोड्यूस कमिटीचो अध्यक्ष (१९७९), शंकरलाल गुरू कमिटिचेर केंद्र सरकाराची नियुक्ती, नॅशनल काऊन्सील ऑफ अॅग्रीकल्चरल मार्केटींग बोर्डाचो उपाध्यक्ष, गोवा बॅडमिंटन असोसिएशनचो जोड सचिव (१९७५) आनी उपरांत अध्यक्ष, गोवा स्वीमींग असोशिएशनचो अध्यक्ष. स्वीमींग फॅरडेशन ऑफ इंडियाचो वांगडी, मडगांव क्रिकेट क्लबचो खजिनदार, मॉडेल एज्युकेशन सोसायटीचो सचिव, दामोदर एज्युकेशन सोसायटिचो संस्थापक अध्यक्ष सम्राट मडगांवचो संस्तापक अध्यक्ष, आनी हेर साबार संस्थांकडेन ताचो लागिचो संबंध आसा.

सामाजीक - सांस्कृतीक वावराची देखदेणो फाटभूंय घेवन ताणें पयलीं १९८९ त कॉंग्रेस पक्षाचेवतीन मडगांव - मतदार संघांतल्यान गोंय विधानसभेची वेंचणूक लडयली. ह्या पयल्या राजकीय वेचणुकेंत ताका हार पत्करची पडली. पूण उप्रांत १९९४ त, भाजप पक्षाचेवतीन, त्याच मदतार संघांतल्यान ताची विधानसभेचेर निवड जाली. उप्रांत सातत्यान तो मडगांव मतदारसंघांतल्यान वेंचून येयत आसा. मदीं कांय राजकीय कारणांक लागून ताणें २००५ त भाजप सोडलो आनी तो पर्थून कॉंग्रेस पक्षांत आयलो. तेन्ना जाल्ले पोट वेंचणुकेंतय तो त्याच मतदारसंघांतल्यान वेंचून आयलो. पयलीं मंत्री म्हणून आनी उप्रांत मुखेलमंत्री म्हणून ताणे गोंयचो कारभार, आम आदमीची उदरगत ही मोख दवरून चलयला.

आनी तेन्नाच्यान कॉंग्रेस पक्षावतीन तो मडगांव मतदारसंघाचे प्रतिनिधित्व करता. कॅबीनेट मंत्री, वीज, कला आनी संस्कृताय (१९९५ ते २००२) कॅबीनेट मंत्री : नागरी उदरगत, खण आनी रान (२००२ ते २००५) वीज, खण आनी कला आनी संस्कृताय (२००५ ते २००७) मुखेलमंत्री (२००७ -) अशी ताची राजकीय कारकिर्द आसा.

मडगांवचो नगरसेवक, आमदार म्हणून काम करपाची संद मेळली तिचें ताणे भांगर केलें. आधुनीक काळांत, ज्या कामांनी, मडगांव शाराची तोखणाय करपासारखो उदरगत जाली तिका मेळिल्ल्या सरकारी फाटबळापरस चड दिगंबर कामतीची प्रामाणीक तळमळ, निसुवार्थी ध्येय आनी दूरदर्शी फुडारीपण कारणीभूत जालें. खारेबांदचो रेल्वे उड्डाणपूल. अग्नीशमन सेवा केंद्र, फातोर्डा - स्वीमींग पूल, जॉगिंग ट्रॅक, येरादारी जुव्यांचें सोबीतकरण, आनाफॉंत झरिचें नुतनीकरण आनी आधुनीक अशा कलात्मक रचणुकेंत रुपांतरण, गोंयचें भूशण अशें, सगळ्यांत चड बसका आशिल्लें रवींद्र भवन ह्या कलामंदिराची उबारणी, शारांभायल्या बाजारपेठेची उबारणी, वीज-उदक पुरवण, रस्ते, पदपथ हांचो विस्तार, ह्यो सगळ्यो सुविधा ताचे कारकिर्दींत मडगांव शाराक मेळूंक पावल्यात.

नगरसेवक, आमदार आसताना, मडगांव मतदार संघांत केल्ल्या उदरगतिच्या प्रयोगांचो विस्तार गोंय राज्यभर करपाचो वावर मुखार मंत्री आनी मुखेलमंत्री जातकीर ताणें हातांत घेतलो आनी कार्यरत केलो. वीजमंत्री म्हणून कार्यभार घेतलो तेन्ना गोंयांत एकाय

वाङ्यार, एकय घर विजे – बगर उरचेना हें ताणें दवरिल्लें उद्दीश्ट सफल जायत आसा. कला आनी संस्कृती मंत्री ह्या नात्यान, खंयचोच ल्हान–व्हड कलाकार, आर्थीक नदरेन परावलंबी उरचो ना ही मोख दवरिल्ल्यान, ताचें कारकिर्दींत चडशा कलाकारांक खंयचे ना खंयचे येवजणेखाला आर्थीक लाब मेळत आसा.

आपलें सरकार हें 'आम' आदमीखातीरचें सरकार ही ताणें सरकार हे संकल्पनेची केल्ली व्याख्या आसा. गोंयच्या राजकीय इतिहासांत, तळागाळांतल्या मनशाक, कोणाचे मध्यस्थीबगर, मुखेलमंत्र्याक मेळपाची सवलत दिगंबर कामतीन दवरल्या आनी 'आम' आदमीखातीरचें सरकार हे व्याख्येचें खरेंपण राखलां.

आयच्या राजकारणांत तगून रावतलो तर कटकारस्थनां सूडकारणां बगर रावप कठीण आसता. दिगंबर कामतीन हो समज फट थारायला. कोणाबद्दल कसलो किंतू मनांत दवरिनासताना, ताणें माफिचें आनी सेवेचें राजकारण स्विकारलां. ह्या नव्या राजकारणाचो प्रयोग करून ताणें थंय यशय जोडलां. म्हणून जायतीं राजकीय मोडां येवंनय तो राजकारणांत थीरतायेन वाटचाल करीत आसा.

– सं. मं.

कामत, माधव विठ्ठल (एम. व्ही. कामत) : (जल्म १९२१ मंगळुर)

राश्ट्रीय किर्तिचो पत्रकार आनी साहित्यकार तागेलें प्राथमीक शिल्प उडुपी बोर्ड स्कुलांत जालें. उच्च माध्यमीक शिकप कोडियालच्या सरकारी कॉलेजींत आनी बी. एस्. सी. मुंबयच्या सँट झेवियर्स कॉलेजींत जालें.

सुर्वेक, पांच वर्सां रसायन शास्त्रासंबंधीं काम केलें उप्रांत, १९४६ त ताणें मुंबयत पत्रकारिता सुरू केली. १९४६–१९५४ ह्या काळांत तो 'फ्री प्रेस जर्नल' हातूंत विशेश सल्लागार आसलो. फुडें हांगाच तो संपादक जालो. काश्मीरच्या शेख अब्दुला बंदखण प्रकरण, गांधी हत्त्या संबंधीत नाथुराम गोडसे कोर्ट प्रकरण, भारताच्या स्वातंत्र्योत्तर काळांत लोकांमदीं निर्माण जाल्ले प्रस्न तशेंच ब्रिटिशां आड स्वातंत्र्य सैनिकांनी मांडिल्लें झूज हे संबंधी तर्कसंगत आनी वास्तववादी पत्रकारितेखातीर ताचें नांव ह्या मळार

परजळीत जालें.

१९६७–६९ त तो ''संडे टायम्स'' चो संपादक जालो. उप्रांत धा वर्सां (१९६९–७८) टायम्स पत्रिकेचो वॉशींग्टन बातमीदार जालो. तागेली समर्पणीय वृत्ती, कामावयली निश्टा, पत्रकारितेंतलो अगाध अणभव हाकालागून अमेरिकेचे पत्रकारितेच्या मळार ताणे व्हड नामना जोडली. १९७८ ते ८१ ह्या काळांत तो 'इलस्ट्रेड विकली' ह्या सातोळ्याचो संपादक आसलो. ताच्या संपादनाखाला ह्या सातोळ्यान नवो रंग आनी आकार घेवन खबरांपत्रांमदीं आपली खाशेली लोकप्रिय अशी सुवात निर्माण केली. १९८१ वर्सा तो पत्रकारितेंतल्यान निवृत्त जालो.

पत्रकारितेवांगडाच एम. व्ही. कामतीचे तितकेंच म्हत्त्वाचें योगदान आसा तें साहित्य लेखनाचें. राजकीय आनी आर्थीक विश्लेक्षण, चरित्र आनी आत्मचरित्र, बँकींग इतिहास आनी जिवनशैली अशा साबार विशयांचेर सुमार चाळीसेक पुस्तकां बरोवन साहित्यमळार, विशेशकरून इंग्लीश साहित्य मळार मोलादीक भर घाल्या. ताणें बरयल्ले कांय उल्लेखनीय ग्रंथ अशे आसात :

१) बियींग किसिंजर – द इनकंप्लीट डिप्लोमेट, २) दी युनायटेड स्टेट ऑफ इंडिया १७७६–१९७६, ३) दी फिलोसॉफी ऑफ डॅथ आनी डायींग, ४) प्रोफेशनल जर्नलिजम. आपापल्या कार्यमळार नामनेक पाविल्ल्या कर्तृत्वी मनशांचीं ताणें चरित्रां बरयल्यात. रामकृष्ण बजाज, टि. ए. पै, अहिल्याबाई होळकर, वर्गीस कुरियन, नानी पालखीवाला हांचीं ताणें बरयल्लीं चरित्रां ह्या मानेस्तांचें जिवीत चित्रीत करतानाच तांचेंकडसून नवें पिळगेक प्रेरणा मेळपाक लागता.

'मणिपाल अकादेमी ऑफ हायर एज्युकेशन' हे मणिपालचे संस्थेंत ताणें सल्लागार म्हणून काम पळयला. तशेंच 'मणियाल इन्स्टिटयूट ऑफ कमुनिकेशन' हे संस्थेचो गौरवाध्यक्ष आनी विज्ञान प्रसार संस्थेचो अध्यक्ष म्हणून काम केलां. २००३ सावन स वर्सां मेरेन तो प्रसारभारती ह्या राश्ट्रीय प्रसार मंडळाचो अध्यक्ष आसलो. मणिपाल फाऊंडेशनान ताचो सन्मान केला आनी मंगळुरचे मंगळ गंगोत्री विश्व विद्यालयान ताचें व्हड साधनेखातीर गौरव डॉक्टरेट प्रदान केल्या. मणिपाल हांगा जाल्ल्या अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या सतराव्या अधिवेशनाचो (जानेवारी १९८९) तो अध्यक्ष आसलो.

– डॉ. जयवंत नायक

कामत, राधाबाई : (जल्म : शिवोले – बार्देस, गोंय)

गोंयची पयली बायल कीर्तनकार. शिवोले ह्या ल्हानशा गांवांत नायक कुटुंबांत तिचो जल्म जालो. तिचें पयलें नांव लिला आसलें. तिचें घरचें वातावरण धार्मीक वृत्तीचें आशिल्ल्यान घरांत. पुजा, जप, भजन, धार्मीक ग्रंथ वाचन सतत जातालें. तिच्या आवयन तिचेर ल्हानपणासांवन धार्मीक संस्कार बरेतरेन केल्ले. वयाच्या बाराव्या वर्सा ती पर्रा गांवच्या मामागेर गेल्ली थंय तिची रामचंद्र पंत कामत चंदगडकर ह्या विद्या व्यासंगी मनशाकडेन भेट जाली. रामचंद्र पंत हाणें क्षेत्र गाणगापूर रावून गुरू चरित्राची पारायणां करून श्री दत्त महाराजाचो अनुग्रह प्राप्त केल्लो. ताणें तिका तिचेकडेन आशिल्ल्या गोड आवाजाचो उपेग इश्वराचें नामस्मरण, भजन, कीर्तन अशा धार्मीक उपक्रमाखातीर करपाचो उपदेश केलो. तिणें रामचंद्र पंत हाका आपलो गुरू मानून कीर्तनाच्या माध्यमांतल्यान आपल्या आराध्य दैवताची, दत्त महाराजाची उपासना करपाचो निर्णय घेतलो. तिका टेंबेस्वामी हांचेय मार्गदर्शन मेळलें.

१९६० वर्सासांवन तिचो कीर्तनप्रवास सुरू जालो. कोल्हापूर, नरसोबावाडी, औदुंबर, गाणगापूर ते बडोदा, अहमदाबाद मेरेन, तशेंच गोंयच्या गांवांनी तिचीं कीर्तनां जाल्या.

गोड आवाज, मनांत भक्तीची प्रेरणा, ईश्वर उपासनेचें ध्येय आनी समाजसेवेची आवड असो संगम तिच्या किर्तनांत घडिल्ल्यान तिचीं किर्तनां लोकप्रिय जालीं.

आदल्या काळांत, गोंयसारख्या प्रदेशांतल्या गांवांत चलयांनी अशें किर्तनासारखी सार्वजनीक स्वरुपाची कार्यावळ गावोंगांवीं करप हें जितकें

अप्रुपाचें तितकेंच तें धाडसाचेंय आसलें. राधाबायन तिका जाल्ल्या ईश्वर उपासनेच्या साक्षात्कारावरवीं अशें धाडस दाखोवन इतिहासीक कार्य केलें.

– **सं. मं.**

कामत, रामचंद्र पांडुरंग : (जल्म : ३० जुलय १९०४, मडकय, गोंय; मरण : २५ मे २०००, मुंबय)

एक आंतरराष्ट्रीय किर्तिचो शिल्पकार.

ताका भुरगेपणासांवन चित्रकार वा शिल्पकार जावपाची इत्सा आसली. पिरायेच्या १३ व्या वर्सा तो घरांतल्यान पळून मुंबय गेलो. मुंबय येवन गिरगांव हांगाच्या 'केतकर्स आर्ट इन्स्टिटच्यूट' हे संस्थेंत ताणें चित्रकलेचें शिक्षण घेतलें आनी थंयच ताणें शिल्पकलेचो अभ्यास केलो. तातूंत ताका उपाट यश मेळलें. १९२८ त, जे. जे. स्कूल ऑफ आर्ट' हातूंत ताणें प्रवेश घेतलो. स्वतंत्र नदरेन विचार करपाची कुवत आनी हेरांपरस आगळी – वेगळी कलाकृती करपाचें कसब पळोवन प्रिन्सिपल ग्लॅडस्टन सॉलोमनण, हाचो कामत आवडटो विद्यार्थी जालो. ताचें उपरांत १९३० त शिल्पकलेचें उच्च शिक्षण घेवपाखातीर तो इंग्लडांत गेलो. थंय ताणें 'रॉयल अकादेमी ऑफ आर्टस्' हे नामनेचे संस्थेंत प्रवेश घेतलो.

कामत, हाच्यो कांय नामनेक पविल्ल्यो कलाकृती म्हळ्यार, सर दिनशा, वाच्छाचो पुतळो (चर्चगेट – मुंबय), लक्ष्मी इन्शुरन्स बिल्डिंग (फिरोजशहा मेहता रोड) लक्ष्मीची व्हडली प्रतिमा, प्रतापगढ किल्ल्यांत शिवाजी महाराजाचो अश्वरोहीत पुतळो आनी झांशी हांगा घोड्याचेर बशिल्ली महाराणी लक्ष्मीबाई हिची १६ फूट उंच मूर्त, बेंगळुरच्या विधानसौदार बसयल्लो चौदा फुटींचो जवाहरलाल नेहरूचो पुतळो. आनी पणजी (गोंय) हांगा आशिल्लो, आबे फारीया, ह्या गोंयकार भूलविद्या जनकाचो, धा फुटाचो पुतळो.

'कलेचे स्वरूप खूब व्हड आसून तिका आमीं एका खंयच्याय रुपांत बांदूक शकनात', अशें कामत हाचें मत आसा.

मुंबयत तो शिकता आसतना 'बॉम्बे आर्ट सोसायटी'च्या वर्सुकी कला प्रदर्शनांत ताणें 'नुस्तेकार भुरगो' नांवाची कलाकृती धाडिल्ली, ताका रुप्यापदक मेळिल्लें.

पिरायेच्या २४ व्या वर्सा, आसतना रामचंद्र कामत हाणें 'आदाम आनी ईव्ह' हांकां ईडनांतल्यान धांवडावप' हे काश्याचे कलाकृतीक रॉयल अकादेमीनीं घडोवन हाडिल्ल्या कलाकृतीचें संवसारीक प्रदर्शनांत ताका भांगरा पदक, शिश्यवृत्ती आनी हेर खुबशे भोवमान फाव जाले. तशेंच कामत हो लंडनच्या रॉयल अकादेमीचें भांगरापदक मेळोवपी एकटोच भारतीय कलाकार आसलो. जेन्ना तो भारतांत परत आयलो, तेन्ना गोंयकारांनी ताचो व्हडा दबाज्यान सत्कार केलो.

– **सं. मं.**

कामत रामदास : (जल्म : १८ फेब्रुवारी १९३१, म्हापशें – गोंय)

मराठी संगीत, नाटकां माचयेवयलो एक उत्कृश्ट लोकप्रिय गायक नट. पणजेच्या पिपल्स हायस्कुलांतल्यान १९४९ वर्सा एस. एस. सी. जाल्या उप्रांत मुंबयच्या विल्सन कॉलेजींत शिकून ताणें बी. ए. ची पंदवी (अर्थ शास्त्रांतली) घेतली.

ताचो बापूय शांताराम रायू कामत, हो एक गायक नट आसलो. तशेंच पणजेच्या महालक्ष्मी मंदिरांत आनी साखळेच्या दत्त मंदिरांत तो पालखेमुखार भजनां करतालो. तेन्ना रामदास, ताचेंवांगडा आसतालो आनी ताका साथ करतालो. अशे तरेन ताका सांगितांतलें मुळावें गिन्यान ताच्या बापायकडल्यान मेळ्ळे.

पिरायेच्या ७ व्या वर्सा, ताणें ''बेबंदशाही'' नाटकांत 'बालराजे'ची भुमिका आपल्या बापायवांगडा करून रंग माचयेर अभिनयाचें पयलें पावल घालें. ह्या नाटकांत ताणें दोन नाट्यगितांय गायलीं आनी तीं लोकांक खुपूच मानवलीं. उपरांत तेरा-पंदरा वर्सांचे पिरायेर ताणें 'स्वयंवर', 'विद्याहरण' आनी हेर नाटकांनी ल्हानशोच भुमिका करून लोकांकडल्यान शाबासकी घेतली. मुंबयचे विल्सन कॉलेजींत शिकताना १९५०, १९५१ आनी १९५२ सालांत सतत तीन वर्सां, आचार्य अत्रे हाच्या 'मी उभा आहे', 'साष्टांग नमस्कार', आनी 'भ्रमाचा भोपळा' ह्या नाटकांनी मुखेल भुमिका करपाची ताका मेळिल्ली संद ताणें आपल्या आंगांतल्या कला अविश्कारान सार्थ करून दाखयली.



कॉलेजिंतले शिकप जातकीर, ताणें आपलो व्हडलो भाव उपेंद्र कामत हाचेंकडेन गायनाची तालीम लागीं लागीं बारा वर्सां घेतली. १९६६ च्या दरम्यान तो आकाशवाणी मुंबय केंद्राचो 'अ' श्रेणींतलो मान्य गायक कलाकार जालो.

''धी गोवा हिंदु असोसिएसन'' हें गोंयकारांचे मुंबयतले संस्थेवतीन जावपी संगीत नाटकांनी ताणें मुखेल गायक नटाच्यो भुमिका करून लोकांमदीं आपली एक आगळी तोखणायेची सुवात निर्माण केली. संगीत 'संशय कल्लोळ', 'संगीत शारदा', 'संगीत मृच्छकटीक' अशा नाटकांतल्यो ताच्यो संगीत भुमिका लोकांक भोवच मानवल्यो. ताच्या ह्या भुमिकांखातीर ताका नाट्यसर्तींत इनामांय फाव जालीं. फुडें 'संशय कल्लोळ', 'सौभद्र', 'मत्सगंधा', 'ययाती देवयानी,' 'मानापमान', 'एकच प्याला', 'मदनाची मंजिरी', हे बंध रेशमाचे', 'मीरा मधुरा', 'धन्य ते गायनी कला', मंदार माला, होनाजी बाळा, आनी हेर वेवसायीक नाटकांनी संगीत भुमिका करून ताणें वेवसायीक रंगमाचयेरय आपल्या कलेवरवीं एक आगळी सुवात आपणाखातीर करून दवरल्या. पंडित जितेंद्र अभिषेकी हाच्या संगीत दिग्दर्शनाखाला ताणें गायिल्लीं संगीत 'मत्सगंधा' आनी 'ययाती देवयानी' नाटकांतल्या नाट्यगितांनी ताका सबंध मराठी प्रदेशांत व्हड नामनां जोडून दिलीं. तशेंच 'धी गोव हिंदू असोसिएशना'न निर्माण केल्ल्या 'मत्सगंधा' आनी 'ययाती देवयानी' नाटकांत ताणें गायिल्ल्या नाट्यगितांचो ध्वनीफिती नामनेच्या एच. एम. व्ही. कंपनीकडसून निर्माण जाल्यो. ह्या ध्वनीफितींनी रामदास हाचें नांव नाट्यगितांच्या मळार अजरामर केले. आतामेरेन ताणें महाराष्ट्र गुजरात, मध्यप्रदेश, उत्तरप्रदेश, दिल्ली, पश्चीम बंगाल, कर्नाटक, तमिळनाडू आनी गोंय मेळून सुमार ४००० विंगड विंगड नाट्य प्रयोगांनी काम केला. तेभायर शास्त्रीय संगीत, नाट्य संगिताच्यो ताचो मैफिली भारतांत आनी विदेशांत आमेरिका, इंग्लंड, हांगा जाल्यात. तशेंच भावगितां, भक्तीगितां आनी फिल्मीगितांचे ताणें पार्श्वगायन केलां. ह्या

गितांच्यो ध्वनीमुद्रिकाय आयल्यात. ताच्या सांखळे गांवच्या श्री दत्तात्रय क्षेत्राची पालखी भजनाची 'पेणी' नांवाची ध्वनीमुद्रिका देवाची – सेवा हे भावनेन ताणें विनामुल्य करून देवस्थानाक दिल्या.

पदवी घेतले उप्रांत कांय काळ ताणें 'ऑफीस ऑफ एकांवटंट जनरल'' ह्या खात्यांत काम केलें उप्रांत १९६० तो 'एअर इंडिया' हे विमान कंपनीन तो कामाक लागलो आनी १९८९ त तो मॅनेजर पदावयल्यान सेवा निवृत्त जालो. विमान कंपनींत आसताना कामानिमतान ताणें जायत्या देशांची भोंवडी केल्या. ताका फुडले भोवमान प्राप्त जाले.

१) १९५८ सालांत महाराष्ट्र राज्य नाट्यस्पर्धा संगीत शारदा (नाटक), भुमिका (कोदंड) खातीर पयलें इनाम.

२) १९६० सालांत, मुंबय मराठी ग्रंथसंग्रहालयातर्फे जाल्ल्या चिंतामणराव कोल्हटकर सतींत मृच्छकटीक नाटकांत चारुदत्त भुमिकेक गावपाचें पयलें इनाम

३) १९८६ सालांत, अखिल भारतीय नाट्यपरिशद मा. दिनानाथ 'सुवर्णपदक' फावो जालें.

४) १९९० सालांत, अखिल भारतीय नाट्य परिशद सं. भू. राम मराठे स्मृर्ती बक्षिसां फाव जालीं.

५) १९९१ सालांत, नाट्यदर्पण प्रतिशठानचेवतीन 'बाबूराव धनवटे' पुरस्कार फावो जालो.

६) १९९३ सालांत गोमंतक मराठी अकादेमी – पणजी – गोंय हांचेवतीन 'मानद अधिसदस्यत्व' फावो जालें.

७) १९९३ सालांत, सम्राट संगीत अकादेमी – फोंडा – गोंय वतीन मा. दिनानाथ मंगेशकर स्मृती वर्सुकी संगीत संमेलनांत संगीत सेवेखातीर गौर पुरस्कार फावो जालो.

८) १९९४ सालांत, भरत नाट्य मंदीर, पुणे हांचेवतीन 'सन्माननीय सभासदस्यत्व' फावो जालें.

९) १९९४ सालांत, सांखळी – गोंय हांगा भरिल्ल्या गोमंतक मराठी साहित्य संमेलनाचे 'स्वागताध्यक्षपद' फावो जालें.

१०) १९९५ सालांत, अ. भा. मराठी नाट्य परिशदेवतीन 'बालगंधर्व' गौरव बक्षीस फावो जालो.

११) १९९५ सालांत, पुणे मराठी ग्रंथालयावतीन 'कृष्णराव गोखले' पुरस्कार फावो जालो.

१२) १९९६ सालांत, गोमंतक मराठी अकादेमी, पणजी, गोंयवतीन 'स्वरसम्राट, मा. दिनानाथ रंग' पुरस्कार फावो जालो.

१३) १९९६ सालांत, सांखळी – गोंय हांगा भरिल्ल्या तिसऱ्या गोमंतक मराठी नाट्य संमेलनाचें 'अध्यक्षपद' फावो जालें.

१४) २००० सालांत, महाराष्ट्र शासन पुरस्कृत अखिल भारतीय मराठी नाट्य परिशद आयोजीत ''बालगंधर्व'' पुरस्कार फावो जालो.

१५) २००० सालांत, पिंपरी चिंचवड महानगरपालिकेवतीन 'बालगंधर्व' पुरस्कार फावो जालो.

१६) ११ जुलय २००१ सालांत, देवळ पुरस्कार सांगली हांगा फावो जालो.

१७) २५ जुलय २००१ सालांत, मुंबय मराठी साहित्य संघाचो 'कै. अनंतराव लिमये' पुरस्कार फावो जालो.

१८) २००१ सालांत, छत्रपती शिवाजी महाराज स्मारक समिती, मुंबय – वतीन 'कै. दत्ता भट' पुरस्कार फावो जालो.

१९) २० एप्रील २००३ सालांत, उपशास्त्रीय

संगिताचो महाराष्ट्र राज्य सांस्कृतीक पुरस्कार फावो जालो.

२०) २००४ सालांत, साताऱ्याच्या कोरेगांव हांगा 'छोटा गंधर्व' पुरस्कार फावो जालो.

२१) १४ जून २००५ सालांत, अखिल भारतीय मराठी नाट्य परिशदेवतीन 'केशवराव भोसले' पुरस्कार फावो जालो. तर अखिल भारतीय नाट्य परिशदेवतीन पं. जितेंद्र अभिषेकी पुरस्कार फावो जालो. जाल्यार ह्याच वर्सा यशवंतराव चव्हाण प्रतिष्ठान मुंबय हांचेवतीन 'स्वरराज छोटा गंधर्व' पुरस्कार (पुणे, विभाग), तशेंच कर्नाटकांतल्या मणिपाल हांगाच्या टि. एम. ए. फांवडेशन 'आवटस्टेंडींग कोंकणी' पुरस्कार फावो जालो.

– शकुंतला भरणे

कामत, वामन के. (के. वी. कामत)

: (जल्म : २ डिसेंबर १९४७, कोडियाबैल – मंगळूर)

बँकींग वेवसायांत नामनां जोडिल्लो एक कर्तृत्वी अर्थकारणी उद्योजक आनी कोडियाल मुनिसिपालिटीचो आदलो अध्यक्ष. कंदापुर विश्वनाथ कामत हो ताचो बापूय आनी उमा कामत ही ताची आवय ताचे घरकान्नीचें नांव राजलक्ष्मी. अजय आनी आशा हीं ताची दोन भुरगीं. ताच्या धाकट्या भावाचें नांव मोहन कामत. के. वी. कामतीचें प्राथमीक शिकप कोडियालांतले सँट एलोसियेस स्कुलांत जाले. सुरतकलच्या रिजिनिल इंजनियरींग संस्थेंतल्यान ताणें मॅकानिकल इंजिनियरिंगची पदवी घेतली. उप्रांत अहमदाबादांतले आय. आय. एम. ए. संस्थेंतल्यान ताणें एम. बी. ए. पदवी घेतली. हांगा ताका ताचें आवडिचें अशें आर्थीक वेवसायाचें गिन्यान प्राप्त जालें. शिकप जाले उप्रांत तो आय्. सी. आय्. सी. आय् बँकेंत रूजू जालो. हांगा ताणें उत्सूक आनी क्रियाशील उद्योजकांक भांडवल उपलब्ध करून उद्योग करपाक प्रोत्साहन दिलें. उप्रांत हे बँकेच्या लिसींग, वेंचर कॅपीटल, क्रेडीट रेटिंग आडळीत निर्वहण ह्या विभागांत काम करून ताणें हे बँकेचो कारभार आनी नामनां वाडयलीं. ताच्या क्रांतीकारी तशे दूरदर्शी विचार आनी निर्णयांक लागून ही बँक बँकींग मळार मुखार सरूंक पावली. उप्रांत १९८८ त एशियन डेवोलोप्मेंट बँकेंत खाजगी क्षेत्र विभागाची जापसालकी घेतले उप्रांत, एशिया खंडांतल्या विशेश करून चीन, भारत, फिलिपाईन्स, इंडोनेशिया, बांगलादेश आनी व्हिएतनाम देशांतल्या खाजगी कंपनीक रिणां दिवन थंयच्या उद्योगिकरणाक प्रोत्साहन दिवंक ताचो व्हड वांटो आसा.

१९९६ सालांत आदीं काम केल्ले आय. सी. आय. सी. आय. बँकेचो तो मुखेली जालो. ताणें हे बँकेचो ताबो घेवचे पयलीं ही बँक चडपणान प्रस्थापीत उद्योगांक आदार करताली. के. वी. कामतीन हातूंत बदल करून वैयक्तीक तशें ल्हान उद्योजकांक आर्थीक रिणां दिवन बँकेची सर्वव्यापी विस्तार केलो. हाका लागून आयज ही बँक आर्थीक मळावयल्या सगळ्या घटकांखातीरची एक भरवशाची बँक जाल्या. हें सगळें साध्य करपाक आवश्यक जाय आसलें ते बँके अंतर्गत प्रशासकीय तशें तात्त्वीक परिवर्तन ताणें घडोवन हाडले. प्रशासनांत आधुनीक तांत्रीक सुविधा निर्माण केल्यो. मानव – मुल्यांकीत उत्पादनांक मध्यवर्ती सुवात दिवन, गिरायकाकडेन उद्दिश्ट सादपी परिणामकारी वेव्हार करपाची वेवस्था केली.

१९९६-९८ च्या कालखंडांत बँकेतर आर्थीक संस्था आनी बँको हांच्यो विलिनीकरणाप्रस्ताव मांडून तो कार्यान्वयीत जावंचो म्हणून ताणें कश्ट घेतले. हाचो परिणाम म्हणून आय.सी. आय. सी. आय. लिमिटेड संस्था आय. सी. आय. सी. आय. बँकेंत विलीन जाली आनी अशे तरेन ह्या संस्थाचो एकत्रीत कारभार आयज एक आदर्शकारभार जावंक पावलो.

के. वी. कामत हाची कुशळकाय वळखून इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ मॅनेजमेंट - अहमदाबाद, इंडियन स्कूल ऑफ बिजनेस, नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ बँक मॅनेजमेंट, मणिपाल अकाडेमी ऑफ हायर एज्युकेशन, नॅशनल काऊन्सील ऑफ कॉन्फेडरेशन ऑफ इंडियन इंडस्ट्रीज अशा साबार नामनेच्या संस्थांनी ताका आपले संस्थेचे मानद वांगडीपण दिवंन तांच्या सल्ल्याचो फायदो घेतलो. तशेंच तांका राश्ट्रीय आनी आंतरराश्ट्रीय मानसन्मान प्राप्त जाल्यात. बँकींग मळार कम्प्युटराचो देखदेणो वापर केल्ले खातीर, 'दी एशियन बँकर जर्नल ऑफ सिंगापूर' संस्थानान दिल्लो 'समर्थ आडळीत निर्देशक' पुरस्कार, 'वर्साचो वित्त व्यक्ती' हो मुंबय मॅनेजमेंट एसोसियेशनान दिल्लो पुरस्कार, विश्व मानव संपन्मूल अभिवृद्धी काँग्रेसीन, मुंबय अधिवेशनांत, मानव संपन्मूल अन्वय केल्लेखातीर दिल्लो. 'समर्थ मुखेल आडळीत निर्देशक' पुरस्कार, 'एशियन बिजनेस लिडर' (२००१), 'बिजनेस इंडियास बिजनेस लिडर (२००५), 'आऊट स्टँडींग बिजनेस लिडर ऑफ द इयर' (२००६) हे सन्मान दिवन ताचो सी. एन. बी. सी. टी. व्ही. १८ हे संस्थेन सन्मान केला.

- डॉ. जयवंत नायक

कामत, विठ्ठल व्यंकटेश : (जल्म : ?)

नामनेचो हॉटेल उद्योजक. वँकटेश आनी इंदिरा ह्या दांपत्याच्या स भुरग्यांमदलो विठ्ठल हो एक भुरगो. ताचो बापूय मुळचो कारवारचो. ताणें पिरायेच्या आठ वर्सा, मुंबय येवन हॉटेलांत काम केलें आनी उप्रांत 'सत्कार' नांवाचें हॉटेल सुरू केलें. बापायचो हो वारसो विठ्ठल हाणें फुडें व्हेलो आनी हॉटेल - वेवसायांत क्रांतिकारी वावर केलो.

मुंबय ग्रान्ट रोड स्टेशनालागिंच्या 'गणेश प्रसाद' इमारतींत रावपी विठ्ठल हाचें शालेय शिकप तालमक्की वाडींतले 'बालकवृंद मराठी स्कूल' आनी 'रॉबर्ट मनी हायस्कुलांत' जालें. उप्रांत इंजिनियरिंगचें शिकप पुराय करून ताणें आपल्या बापायच्या 'सत्कार' हॉटेलांत काम सुरू केलें. ताचें बायलेचें नांव विद्या आनी चल्याचीं नांवां विशाल आनी विक्रम.

कर्नाटकाचो जैतिवंत हॉटेल उद्योजक आर. पी. कामत हो विठ्ठलाचे आवयकडसून नातलग जाता. ताणें विठ्ठलाकडेन ताच्या २-३ हॉटेलांची जापसालकी सोंपयल्ली. हांगा हॉटेलींगचे काम शिकले, उप्रांत तो लंडनांत वचून थंय ताणें 'शान' ह्या भारतीय हॉटेलांत 'शेफ'चें काम केलें. लंडनांतल्यान इटलींतले व्हेनीस, आस्ट्रेश्याचें व्हिएन्ना, आनी जपानांत वचपाची ताका संद मेळली. ह्या देशांनीं काम करताना ताणें नवीन रितिची खाणां करून गिरायकांक आकर्शीत करपाची कला अवगत केली. तशेंच कसलेंच काम करूंक लज दिसपाची गरज ना आनी प्रयत्न केल्यार खंयचेय परिस्थितिंतल्यान मार्ग काडू येता, ह्यो धंद्याच्यो गजाली तो शिकलो. भारतांत येवन गुजरातांत वापी गांवांत हॉटेल सुरू केलें. उप्रांत, जगभर सुमार चारशें खाणावळी (रेस्टॉरंटां) उक्त्यो करून ह्या धंद्यांत विठ्ठलान विक्रम केलो. 'मुंबयचें एअर पोर्ट प्लाझा'हें

हॉटेल घेवन ताचें 'कामत प्लाझा' अशें नामकरण करून आनी उप्रांत ताचें पंचतारांकीत हॉटेलांत रूपांतर करून ताणें आपलें नांव ह्या धंद्यात जोडलें. परदेसांतली निसर्गप्रिय (इकोटेल) हॉटेल पद्दतिचो आदर्श दोळ्यांमुखार दवरून ताणें 'आर्कीड' नांवाचें डिलक्स पंचतारांकीत हॉटेल निर्माण केलें. (१९९७) ह्या हॉटेलाक ''जागतीक ग्रीन ग्लोब अॅवर्ड'' प्राप्त जालां.

– डॉ. गीता शैणै.

कामती, राम : (जल्म : १६५०; मरण : १७२५)

एक बुदवंत, चोख वेव्हाराचो, लोकांच्या आनी सरकाराच्या विस्वासाचो, हिंदू समाजाचो मुंबय शारांतलो फुडारी.

१६६२ वर्सा पयलींच ताचें पूर्वज गोंयच्यान मुंबय गेल्ले. राम कामतीन, सुर्वेक कंपनी सरकाराकडल्यान तंबाखुचो वेपार करपाखातीर सगळे हक्क मेळयल्ले. ह्या धंद्यांत ताका बरें येस मेळिल्ल्यान तो अफू, साकर, शिशें, लोखण, कथील आदींचो वेपार देशांत आनी परदेशांत करुंक लागलो. त्या वेळार इंग्लीश गव्हर्नर ताची बुद्द घेतालो. सरकारी दरबारांत ताका पयलो मान आसलो.

इंग्लीश न्यायसभेंत तो वयल्या पांवडच्याचो हिंदी न्यायाधीश आसलो. धर्मीक आनी सात्वीक चलणुकेचो मनीस म्हणुनूय ताची नामनां आसलीं. ताका देवळां बांदपाची आवड आशिल्ल्यान, मुंबय शारांत जाणें सामळियालाल हाचें देवूळ बांदलें. तशेंच वाळकेश्वराक, शिलाहार काळांतले मोडिल्लें म्हादेवाचें देवूळ पर्थून बांदले. तो बुदवंत आनी हुशार सराफ म्हूण ताच्या तरणेपणांत मुंबयच्या काउन्सिलांत ताका वेंचून काडिल्लो. जंजिऱ्याच्या सिद्दिचे घुरयेवेळार ताणें बरी कामगिरी केली.

राम कामतीची हुशारकाय लक्षांत घेवन कंपनी सरकारान ताका टांकसाळिचो मुखेल अधिकारी म्हूण नेमलो. मुखार १७१८ वर्सा सगळ्या देशी सैन्याचेर मुखेल म्हूण आनी उपरांत मास्टर जनरल म्हूण ताची नेमणूक जाल्ली.

राम कामतीक हिंदुत्वाचो अभिमान आशिल्ल्यान ताचो ब्रिटिशांकडेन वाद जावंक लागलो. भर दिसा उक्ताडार मांसाखातीर गायो मारपाची ब्रिटिशांची चाल ताणें बंद करुंक लायली आनी गायचे मांस मुंबयत भायरसून हाडपाक लायलें. हाका लागून ब्रिटीश अधिकारी आनी मुंबयचो गव्हर्नर बून हाचेंकडेन ताचें वायटपण जालें. तेन्नाच कान्होजी आंग्रेकडेन खांदेरी हांगासर ब्रिटिशांचे झूज जाल्लें, तातूंत ब्रिटिशांक हार खावची पडली.

राम कामती, आंग्रे हाका मेळिल्ल्यान ब्रिटीश हारले अशी लडायेच्या २ वर्सां उपरांत ब्रिटिशांनी ताचेर आरोप केलो. तेखातीर कोर्टांत ताका आजल्म बंदखणिची ख्यास्त फर्मायली आनी ताची सगळी मालमत्ता जप्त करून अखेर पिरायेच्या ७५ व्या वर्सा ताका बंदखणितूच मरण आयलें. राम कामतीच्या सामाजीक आनी राजकीय उत्कर्शाच्या दुस्वासांतल्यान, ब्रिटीश अधकाऱ्यांनी कट करून ताचेर फटिचे आरोप करून ताका बदनाम केल्लो. हें सत ताच्या मर्णाउप्रांत सुमार २३ वर्सांनी उक्ताडार आयलें आनी ताका निर्दोश म्हणून जाहीर केलो. ताच्या जिविताचेर आदारीत शणै गोंयबाब हाणें ''पुण्यात्मो राम कामती'' (कोंकणी) हें चरित्र आनी के. जी. मल्ल्या हाणें ''द मर्चंट ऑफ बॉम्बे''

(इंग्लीश) ही कादंबरी बरयल्या.

त्या काळांतल्या मुंबय प्रदेशाच्या सामाजीक, आर्थीक, राजकीय आनी धार्मीक उदरगतिखातीर व्हड योगदान दिवप्यांमदीं राम कामती हाची सुवात खुपूच वयली थारता.

– सं. मं.

– के. जी. मल्ल्या.

कामथ, उप्पिना कुद्रू कोग्गा देवण्णा : (जल्म : १९२१,कुंदापूर, दक्षीण कॅनरा, कर्नाटक)

कर्नाटकांतल्या कठपुतळी रंगमाचयेवेले कलाकार. ताच्या घराण्यांत ३०० वर्सां मेरेन कळसुत्री बावल्यांच्या खेळाची परंपरा चालू आशिल्ल्यान ताचो चुलत पणजो लक्ष्मण भागवत हाणें ह्या खेळाच्या सादरिकरणाखातीर एक पंगड स्थापन केल्ले. ताचो पुतोणो कोग्गा हाचो आजो आनी ताचो पुतोणो नारायण कामत हे ताका मदत करताले. ह्या कलेचे शिक्षण कोग्गाक, आपल्या बापायकडल्यान, देवण्णा पद्मनाथ कामत आनी नागप्पा भागवत हाचेंकडल्यान मेळ्ळे १९४१–१९५४ वर्सां मेरेन कामत शारांत रावन आनी १९५५ वर्सा परत आपल्या गांवांत आयलो. थंय ताच्या बापायच्या आदारान ३०० कळसुत्री बावल्यांची दुरूस्ती केली. तशेंच १९६६ ह्या वर्सा, कुंदापूर हांगा, ऑल इंडिया हँडीक्रॉफ्ट बोर्डान ह्या खेळाखातीर प्रशिक्षण केंद्र स्थापन केलें. १९७१ वर्सा देवाण्णान संवसार सोडलो आनी कोग्गा कामतीन केंद्राचो कारभार चलयलो. ह्या केंद्राचे नांव 'श्री गणेश यक्षगान गोंबे अत्ता मंडळी' अशें आसलें.

१९७२ वर्सा ह्या मंडळान, संगीत नाटक अकादमीन, दिल्ली हांगा आयोजीत केल्ल्या 'मास्कस अँड पपेट्झ' ह्या महोत्सवांत आपलो कार्यक्रम सादर केल्लो. त्याच वर्सा कर्नाटक राज्य अकादमीच्या सहाय्यान के. शिवराम कारंथ हाणें चर्चासत्र आनी महोत्सव सादर केल्ले. थंय ह्या मंडळाक पयलें इनाम मेळिल्लें.

१९६६ वर्सा, देवाण्णा कामत हाका ह्या कलेक लागून राष्ट्रपती पुरस्कार प्राप्त जालो.

१९७८ वर्सा, फ्रान्सांत जाल्ल्या ५ व्या ट्रँडिशनल आर्ट्स फेस्टिव्हलांत कोग्गाच्या पंगडान आपली कला सादर केल्ली तशेंच १९७९ वर्सा, ॲमस्टरडॅमच्या रॉयल ट्रॉपिकल इन्स्टिट्यूट हांगाय ताणें कार्यक्रम सादर केल्लो. त्याच वर्सा कळसुत्री बावल्यांच्या खेळांत केल्ल्या कार्याखातीर आनी कलाप्रकाराक नामना हाडून दिल्ल्याखातीर कोग्गा कामत हाका संगीत नाटक – अकादमीचो पुरस्कार फाव जालो.

– सं. मं

कामथ, कासरगोड गोपीनाथ (के.जी. कामथ) : (जल्म : ३० डिसेंबर १९२६, कासरगोड – केरळ)

कोंकणी आनी कन्नड नाटककार आनी संगितकार. ताचें शालेय शिकप कासरगोडच्या बोर्ड हायस्कुलांत जालें आनी तो १९४३ त मॅट्रीक पास जालो.त्याच वर्सा तो मुंबय आयलो आनी ताणें 'लाईफ इनसुरन्स कॉरपोरेशनांत नोकरी धरली. उप्रांत १९४५ त तो मुंबयच्या 'इंडियन युनायटेड मिल्स'त कामाक लागलो आनी हांगा ३४ वर्सां काम केले उप्रांत 'गॅमन इंडिया लिमिटेड' हे कंपनींत इन्सुरन्स अधिकारी म्हणून १२ वर्सां काम करून सेवा–निवृत्त जालो.

पिरायेच्या पंदराव्या वर्सा शाळेंत शिकताना

ताणें नाटकां करपाक सुरवात केली. ताचें पयलें नाटक "विलायती वर थू" आसलें. मागीर 'गृहिणी गृहमुचते', 'देवान साक्षी दिल्ली', 'वाची की ना मोरु' हीं ताणें बरयल्लीं नाटकां आनी तीं मुंबयचे "कोंकणी त्रिवेणी संगम' हे संस्थेन माचयेर हाडलीं. "सोयरी येता जाग्रते", "बांदूक बलो', 'जांवई न्हय भाचो' ह्यो ताणें बरयल्ल्यो एकांकिका आसात. ताच्या चडशा नाटकांनी संगीत आसलें आनी तातुंतली पदां ताणें स्वता गायल्यां आनी ताणेंच ताका संगीतय दिलां. तेभायर ताणें भक्तीगितां तशीं भजनांय बरयल्यात. ताणें दोन कन्नड नाटकां बरयल्यात. ताचें 'संगीत सरस्वती' हें कोंकणी नाटक राज्यस्तरीय नाटक सर्तींत, मुंबयच्या रवींद्र नाट्य मंदिरांत जालें आनी ताका पयलें इनाम फाव जालें. ताचें दुसरें कन्नड नाटक 'पुरंदर दास' आसलें.

ताणें बरयल्लीं ३० परस चड कोंकणी आनी कन्नड रेडिओ नभोनाट्यां, मुंबय आनी बंगळुरच्या आकाशवाणी केंद्रावयल्यान वितरीत जाल्यात.

– सं. मं.

कामथ, रंगप्पा पांडुरंग : (जल्म : २१ मे १९१९ बेंग्रे-भटकळ-कर्नाटक). दक्षीण भारतीय पद्धतीचें जेवण दिवपी खाणावळ उद्योजक. हो उद्योग विश्वव्यापी करपाक रंगप्पा हाचें व्हड योगदान आसा. सुर्वेक हुबळी रेल्वे स्टेशनावयल्या, रेल्वे कँटीनांत ताणें सादें काम केलें. घरचे परिस्थितीक लागून शिक्षण सोडून ताका तें करचें पडलें. उप्रांत व्हडलो भाव सुब्राय आनी नागप्पा हांचे वांगडा १९३१त ताणें रेल्वे काफी सेंटर चलोवपाक घेतलें. फुडें १९३६ त 'छाया रेस्टोरंट' नांवाचें हॉटेल ताणें सुरू केलें. हें हॉटेल म्हणजे ह्या धंद्यांत ताचें पयलें पावल आसलें. व्हडलो भाव सुब्राय हाणें रंगप्पाक भागिदार करून १९३८ त 'वसंत भवन' नांवाचें हॉटेल हुबळींत सुरू केलें. फुडें १९४२ त हें हॉटेल पुरायपणान रंगप्पाच्या वेवस्थापनाखाला आयलें. १९४८ त रंगप्पाकडेन आशिल्लें सुमार ८ हजार रुपयांचें भांडवल घालून फुडाराक खाणावळ उद्योगाच्यामळार क्रांती घडोवपी 'कामत हॉटेल' सुरू केलें. फुडाराक १९५८ त गदग १९६३ त दावणगिरी, १९६५ त बेंगळुर, १९६६ त मडगांव, १९६८ त होन्नावर, १९६९ त हैदराबाद,



१९७५ त गुलबर्गा, १९७९ त धारवाड अशीं एकाफाटल्यान एक करीत बेंग्रो आर. पी. कामत ग्रुपाचीं हॉटेलां सगळेकडेन सुरू जालीं. ही हॉटेलांची साखळ वाडत रावून आयचे घडयेक २० शारांनी सुमार ५० हॉटेलांचे साम्राज्य निर्माण जालां. दक्षीण भारतीय पद्दतिचीं विंगड विंगड खाणां, ह्या खाणांचो उत्तम दर्जो, बसपाक उठपाची नितळ आनी आकर्शक बसका तशें तत्पर सेवेक लागून कामत हॉटेलांक लोकांकडसून बरी नामनां मेळूंक पावल्या.

– सिद्धापुर वासुदेव भट्ट– कार्कळ

कामथ, शेषगिरी पांडुरंग : (जल्म : २१ नोव्हेंबर १९२७– बेंग्रे – भटकळ – कर्नाटक)

बेंग्रे पांडुरंग कामत हाचो पूत आनी हॉटेल उद्योजक रंगप्पा हाचो धाकटो भाव. प्राथमीक शिकप जालें उप्रांत ताणें हॉटेल वेवसायांत पावल दवरलें. हुबळी रेल्वेस्टेशनावयलें व्हडल्या भावाचें, रंगप्पाचें कँटीन शेषगिरीकडेन चलोवपाक आयलें. तेन्नासांवन ताची ह्या वेवसायांतली स्वतंत्र कारकीर्द सुरू जाली. तेन्ना आनी उप्रांतय ह्या वेवसायांत ताका ताच्या व्हडल्या भावाची रंगप्पाची व्हड मजत जाली. फुडें १९५६ त ताणें ओपन रेल्वे कँटीन सुरू केलें आनी कांय तेंपान थंयच आनीक एक कँटीन सुरू केलें. उप्रांत ताणें १९६२ त 'लॉजींग आनी बोर्डींग' चो वेवसाय 'अलंकार हॉटेल' घालून सुरू केलो. सद्याक ताचीं कर्नाटक आनी महाराष्ट्र राज्यांत वट्ट १४ शाकाहारी हॉटेलां आसात.

ताणें ह्या उद्योगांत केल्ल्या वावराची पावती म्हणून हुबळी रोटरी क्लबान ताचो भोवमान केला. हॉटेल ओनर्स एसोसियेशनचो सलग १३ वर्सां अध्यक्ष जावपाचोय मान ताका फाव जाला. १९४७ त लग्न जाल्ल्या शेषगिरी हाका चार पूत आनी स धुवो आसात.

– सिद्धापुर वासुदेव भट्ट – कार्कळ

कामथ, सुर्यनाथ उपेंद्र : एक साहित्यीक, पत्रकार, इतिहास संशोधक आनी समाजसेवक. कर्नाटकाच्या इतिहासाचेर प्राविण्य जोडिल्ल्या सुर्यनाथ हाणें कर्नाटक गॅझेटियराचें संपादन केलां.

धारवाडचे कॉलेजींत पदवीचें शिक्षण घेतले उप्रांत, ताणें नागपुरांत आर. एस. एस. संघटनेंत तीन वर्सां काम केलें. मागीर हे संघटणेचो पूर्ण काळीन प्रचारक जावन बेळगांव, गदग, दावणगिरी आनी हेर कडेन राश्ट्रीय स्वयंसेवक संघाचें (आर. एस. एस.) प्रचार कार्य केलें. ह्याच सुमाराक विजयनगर कालदह्लि तुळुनाडु ह्या विशयाचेर प्रबंध बरोवन ताणें डॉक्टरेट प्राप्त केली. १९६८ त ताणें बेंगळुरच्या विश्वविद्यालयांत ताणें इतिहास विभागांत उपन्यासक म्हणून काम केलां.

१९७७ त बेंगळुरच्या 'मिथिक सोसायटिच्या त्रैमासिकाचो तो संपादक आसलो. तशेंच बेंगळूर विश्वविद्यालयाची 'साधने पत्रिका' आनी 'इतिहास दर्शन' हांचो संपादक आसलो. तेभायर 'इंडियन एक्स्प्रेस', 'डेक्कन', 'प्रजावाणी' हातुंतूय ताणें लेखन केलां. 'कर्नाटक गॅझेटियर'चो संपादक जावंक ताणें हो इतिहासीक असो गॅझेटियर प्रकल्प यशस्वीपणान पुराय केलो. 'कर्नाटक समृद्धी योजना परिषद' नांवान कर्नाटकाची सर्वांगी समृद्धी करचेखातीर निर्माण जाल्ले संस्थेचो तो मुखेल कार्यदर्शी आसलो. ताचें कारकिर्दींत कर्नाटकाच्या साबार विशयांचो अभ्यास करून, राज्या उदरगतीच्यो येवजण्यो मुखार हाडप जालें. १९९२ त तो 'मिथीक सोसायटी'चो अध्यक्ष जालेउप्रांत ताणें संस्थेच्या प्रशासकीय तशें कार्यावळीच्या संदर्भांत जायत्यो नव्यो गजाली हाडून संस्थेचें कार्य सक्षम केलें.

संसोधनात्मक लेखना वांगडा ताणें सृजनशील लेखनय केलां. 'कर्नाटक संक्षिप्त इतिहास', 'विजयनगर साम्राज्य', 'भारतीय संस्कृती समिक्षा', 'कर्नाटक गांधी' ही ताणें बरयल्ली कांय वैचारीक कृती आसात. 'थेम्स निंद गंगेगे', 'ईसि जैसिदवरू, कृष्णदेवराय मुछ्ळित' आदी ह्यो ताच्यो कन्नड भाशेंतल्यो कादंबऱ्यो आसात. ताणें कन्नड भाशेंत कथाय बरयल्यात. 'बेळ

गिद तावरेगळु,' 'विजय नगरद कतेगळु', 'वीर राणी अब्बक्कां,' 'केळदी चेन्नम्माजि', 'कर्नाटक इतिहास कथा मंजिरी', 'कर्नाटक वीर रणियारु' हीं ताचीं कथेचीं पुस्तकां आसात. ताच्या 'कर्नाटक संक्षिप्त इतिहास' ह्या पुस्तकाक कर्नाटक साहित्य अकादमीचो पुरस्कार (१९७३), बेंगळूर विश्व विद्यालयाचो 'इतिहास संशोधन' पुरस्कार (१९८०), तुळु साहित्य अकादमीचो 'अग्रगण्य व्यक्ती' पुरस्कार (१९७७), कर्नाटक राज्याचो 'कर्नाटक राज्योत्सव' पुरस्कार (१९९९) प्राप्त जाला. 'सुर्यकीर्त', शिर्शक आशिल्लो ताचो गौरव ग्रंथ प्रकाशीत जाला (२०००).

– सिद्धापुर वासुदेव भट्ट – कार्कळ

कामाक्षी देवस्थान – शिरोडें : गोंयचें एक देवस्थान. जुवारी न्हंयच्या देगेर आशिल्ल्या राय गांवांत आशिल्लें हें देवूळ पुर्तुगेज राजवटींत सौंदेकार राजाच्या ताब्यांत आशिल्ल्या अंत्रूज म्हालांतल्या शिरोडें गांवांत वसलां. मन भुलोवपी आनी काळजाक थाकाय दिवपी ही देवी आशिल्ल्यान तिका कामाक्षी अशें नांव पडलां. हें देवूळ मूळ साश्टी तालुको, राय गांवांतले. ते १६ व्या शेंकड्यांत फोंडें तालुकाच्या आदिलशाहाच्या राज्यांत स्थालांतर करून हाडिल्ल्याची कारणां, तशेंच स्थलांतराआदींच्या काळांत राय हांगा तें देवस्थान आसतना थंय खंयच्या देवांची स्थापनां जाल्लीं, आतां स्थलांतराउपरांत शिरोडें हांगा खंयचें देव स्थापीत जाल्यात, हाची वेगवेगळी म्हायती मेळटा.



सुरवेक कामाक्षी जेन्ना, रायांतल्यान जुवारी न्हंय हुपून शिरोडें गांवांत आयली तेन्ना तिची थापणूक 'वाजे' वाड्यार जाली. पूण पलतडी पुर्तुगेजांचे साश्टींतले मुखेल लश्करी ठाणें आशिल्लो रायतूरचो किल्लो लागीं आशिल्ल्यान, थंयच्यान देवीची मुर्ती 'भरभट' वाड्यार हाडली. थंय ती सुरक्षीत दवरपाक कठीण जाल्ल्यान निमणें देवीचें देवूळ शिरोडेच्या सद्याच्या थंळ वाठारांत उबारलें.

पौराणीक कथा :

पश्चीम कोंकणच्या देगेक रै (सध्याचे राय) नांवाचो एक गांव आशिल्लो. कुबेराच्या उपवनाप्रमाण तें बेट आशिल्लें. कारण तें जगत्पती विष्णूचें अधिष्ठान आशिल्लें. तशेंच भवानीपती हर हो देव ह्या नांवान आनी कमलपती हरि हो नारायण ह्या नांवान भक्तरक्षणार्थ थंय रावताले. तांचें रक्षण करपाखातीर भैरव आनी पुरुष हे दोन बलवान दूत थंय रावताले. त्या गांवांत अग्निमूख नांवाचो एक श्रेष्ठ ब्राह्मण रावतालो.

ह्या सत्यनिष्ठ आनी अजातशत्रू ब्राह्मणाक गुणाकार नांवाचो चलो आशिल्लो. भुरगेपणांत त्या पितृभक्त चल्याची मूंज जाली. तो अग्निमूख ब्राह्मण उच्चवृत्तीन उपजिविका करून हरिहरांची पुजा – अर्चा करतालो. विष्णूसुक्तां आनी सहस्त्रनाम हांचें पठन करून ताणें नारायणाक संतुश्ट केलो. ताकालागून, ताका रामापती

विष्णूचो साक्षात्कार जातालो. एक दीस ताचो चलो समिधा आनी दर्भ हाडपाखातीर लागशिल्ल्या रानांत गेलो. पूण ताका दर्भ, समिधा मेळ्ळी ना म्हूण बापायची आज्ञाप्रमाण मानून तो अटंग रानांत गेलो. त्या रानांत शींव, वाग, रान धुकर, माकड आदी जनावरां आशिल्लीं. त्या रानांत भोंवतकीर तो भियेलो आनी तो मंत्र म्हणत घरा येवपाचे वाटेक लागलो. थंयच ताका एक महाबलवान दैत्य दिसलो. तो महिषासुराचो चलो कानीन प्रतिमहिषासुरूच आशिल्लो. तो दैत्य दिसपांत भयंकर आशिल्लो. त्या ल्हान चल्याक गुणाकाराक रोकडोच त्या राकेसान गिळलो आनी दर्भसमिधा घरा लागसार हाडून उडयलो. आपलो चलो अजुनूय घरा कसो परतलो ना, हाचीं चिंता करीत तो रानावटेन गेलो. जंय दैत्य रावता थंय तो पावलो. पूण थंय ताचो चलो दिसलो ना म्हणून ताणें ह्यो दर्भ-समिधा कोणें उडयल्यात? म्हज्या चल्याक गुणाकाराक तुमी पळयला व्हय? अशी चवकशी त्या दैत्याकडेन करतना, त्या दैत्यान ताका म्हळें, 'तुज्या चल्याक हांवें खावन उडयला आनी आतां हांव तुका खातलों. हीं उतरां आयकनाफुडें अग्निमूख खूब भियेलो ताणें पळ काडली. ताच्या फाटल्यान तो दैत्यूय धांवपाक लागलो. पूण शेवटाक त्या श्रेष्ठ ब्राह्मणान मंत्र म्हणून आनी वेगवेगळे उपाय करून त्या राक्षशापासून ताणें सुटका करून घेतली. भियेल्लो ब्राह्मण हरिस्मरण करीत हरिहरांच्या म्हऱ्यांत वचून रडपाक लागलो. तें पळोवन हरिरान म्हळें, 'तूं आमचो भक्त, मागीर इतको दुख्खी कित्याक? तुजें दूख सांग.' ब्राह्मणान म्हळें, 'देवा! तूं म्हाका विमूख जाला. धर्मकार्याखातीर समिधा हाडपाक हांवें म्हज्या चल्याक धाडिल्लो, ताका आज महिषासुरान खावन उडयलो, तो म्हाकाय खावपाक आयिल्लो, ताका पळोवन हांवें पळ काडली. म्हणून म्हजो चलो जितो जावचो, दैत्याचो वध जावचो आनी धर्मकर्माचें रक्षण जावचें, हेखातीर तुमीं उपाय करात.' हरिहरान म्हळें, 'निश्चींत राव. तुज्या चल्याक कांयच जावचें ना. जंय भक्तांचें कल्याण करपी कामाक्षिका आसा, जंय श्रीविष्णू – रुद्र आदिंचो वास आसा, त्या रै (राय) क्षेत्रांत वचून आदिमायेक माहिषासुरवधाखातीर प्रार्थना कर.'' हें आयकून अग्निमूख ब्राह्मणाक मात्सो धीर आयलो आनी ताणें अभय सिद्धीखातीर हरिहरांची स्तुती करपाक सुरवात केली. ब्राह्मणान कामाक्षी देवळांत वचून देवाचें दर्शन घेतलें आनी तिची स्तुती केली. कमाक्षीन म्हळें, ''ब्राह्मणा, आमीं रै (राय) गांवांत वचुंया, हांव त्या दैत्याचो वध करतली आनी तुजो चलो तुज्या सुवादीन करतली. तूं भियेव नाका. तूं मुखार चल. हरिहर जंय रावता त्या पर्वताचेर हांव रोकडीच येतली.' देवी पर्वतार आयली आनी तिचो सत्कार जालो, आनी व्हडा दबाज्यान तिचो जयजयकार जावंक लागलो. अशे रितीन ती राय नगरांत रावली.

दुसऱ्यादिसा, हरि, हर, भैरव आनी द्विज हांचेबरोबर ती त्या बलवान दैत्याचो वध करपाक रानावटेन गेली. तिणें बरोबर साडेतीन कोटी भूतगण हाडिल्ले. तांची तोंडां तीक्ष्ण आनी भिरांकूळ आशिल्लीं. देवीचे हें येदें व्हडलें सैन्य पळोवन दैत्य भियेवन तिका शरण गेलो आनी म्हणूंक लागलो, ''हे देवी अंबिके, म्हजें रक्षण कर. हांव तुजो दास. तुका शरण आयलां.' ताचे ते उद्गार हरिहरान आयकले आनी म्हळें, 'अग्निमूख ब्राह्मणाल्या चल्याक ताच्या सुवादीन बेगोबेग कर.' कामाक्षीन म्हळें, 'तुजो जीव तुका जाय जाल्यार ब्राह्मणाल्या चल्याक ताच्या सुवादीन कर आनी रोकडोच पाताळांत वच. तूं म्हाका शरण

आयला खरो, नाजाल्यार हांव तुजो वधूच करपाची.' हें आयकून दैत्यान आपल्या पोटांतलो, तोंडांतल्यान भायर काडून ब्राह्मणाल्या चल्याक ताच्या सुवादीन केलो आनी ताणें म्हळें, 'हे अंबिके, ह्या भुरग्याक दिवन हांव पाताळ देवळांत वता. उपरांत कामक्षीचे भक्तीक लागून ब्राह्मणाक आपलो चलो परत मेळ्ळो. ब्राह्मणान देवीची स्तुती केली. ब्राह्मणाच्या आनी हेरांच्या स्तुतीक लागून देवी प्रसन्न जाली आनी तुमचें सदांच कल्याण जावचें, असो आशिर्वाद दिवन ती विष्णु शिवदेवांबरोबर रै (राय) नगरांत वचून दिव्य अष्टकेतन देवळांत रावली. कामाक्षीन म्हळां, 'जेन्ना म्हज्या भक्तांक चोर, प्रेत, आदींचो भंय उत्पन्न जातलो, तेन्ना महाप्रतापी भैरवाच्या घांटांच्या नादान तांचो भंय वतलो. तांचेर आयिल्लीं संकटां पयस करपाखातीर साठ हजार गण आनी साडेतीन कोटी भुतां येत रावतलीं, आनी तेखातीर भंय ना जातलो. हें आयकून ब्राह्मण आपल्या चल्याक घेवन, भुंयमुक्त आनी आनंदीत जावन घरा गेलो. आनी अशेतरेन ती ब्राह्मणाक प्रसन्न जावन ती रै (राय) गांवांत म्हणजेच राय गांवांत आसाम (आदलें कामरूप) हें श्री कामाक्षी देवीचें मूळपीठ. आसामांत जो कामरूप वा काहून वाठार आसा, त्या वाठारांत कामाक्षी देवीचें थळ नामनेचें तीर्थथळ आसून तें 'कामाख्या' ह्या नांवान वळखतात. हे देवीक 'कामाख्या' नांव कित्याक पडलें ताचें कारण शिवान अशेतरेन सांगलां : शिव म्हणटा – नीनाचलाचेर, देवी म्हजेकडेन रममाण जावपाखातीर गुप्त रूपान येताली म्हूण तिका कामाख्या नांव पडलें (कालिका पुराण ६१). कामाख्या मंदिर हें शक्तिपुजेचें एक मुखेल थळ आसा. कामाख्या हें नांव सुमोच, कोमोच आनी हेर ऑस्ट्रीक उतरांचें संस्कृतीकरण आसा, अशें डॉ. काकती हाचें मत आसा.

इस. आठव्या शतमानांत रचिल्ल्या वज्रतंत्रांत आनी धाव्या शतमानाच्या सुमाराक कालिका पुराणांत, कामाख्यांत कामाख्या मंदिर हें तांत्रीक पुजा केंद्र म्हूण प्रतिशठीत आसा.

'सर्वत्र विरला चाहं कामरूपे गृहे गृहे'

(तंत्रचुडामणी पीठमाला)

अर्थ : कामाख्या म्हणटा : हांव सगळेकडेन दुर्लभ आसा. पूण काव्य स्वरूपांत म्हजो वास (अस्तित्व) दरेका घरांत आसा.

कामाख्येचें ल्हवल्हव आर्यीकरण जालें. काळांतरान तिच्या स्वरूपांतूय बदल जालो. तिचें भोंवतणी नव्यो नव्यो कथा, आख्यायिका तयार जाल्यो. कामाख्येविशीं दोन आख्यायिका आसात, त्यो अशो :

१) राजा नरक देवीच्या रुपाचेर सामको भुल्लो. ती आपली घरकान्न जावची, अशें ताच्या मनांत भरलें. देवीक हो बेत आवडलो ना. म्हूण तिणें राजाक अट घाली, जर राती भितर म्हजें देवूळ बांदशीत, तळें खणशीत आनी दोंगराच्या माथ्यामेरेन फातराचो रस्तो तयार करशीत तर हांव तुजी बायल जातां. राजान अट मान्य केली. त्याप्रमाण, इतकें सगळें बांदकाम एकेच रातींत राजान पुराय करीत हाडलें तें पळोवन देवी भियली. तिणें बेगोबेग कोंब्याक साद घालपाक लायलो. अशेतरेन देवीन आपली सोडवणूक करून घेतली.

२) दर सांजवेळा धुपारतीच्या वेळार देवी देवळांत नृत्य करताली. त्यावेळार सगळीं दारां बंद आसतालीं. कोणाकूच तें नृत्य पळोवपाची परवानगी नासली. पूण त्यावेळार कोच राजाक देवीचें तें नृत्य पळोवचें, अशें दिसलें. ताणें पुजाऱ्याक फटोवन दाराचे खाचिंतल्यान तें नृत्य पळयलें. देवीक हें कळटकच देवी रागार

जाली. तिणें पुजाऱ्याचें मस्तकूच कातरून उडयलें. तेन्नासांवन कोच राजा केन्नाच देवीच्या देवळांत गेलो ना.

आसामांत, दर वर्सा आषाढ म्हयन्यांत अंबुवाची परब जाता.

कामाक्षी देवीचें देवूळ हें गोंयच्या मंदिर कलेच्या लखलखीत दायजाची याद करून दिता. आयज गर्भकुडींत कामाक्षी देवी महिषासूर मर्दिनीचे रुपांत आसा तर देवळांत दत्तात्रय आनी मारूती आसा. गर्भकुडिचे दावेवटेन काळभैरव, उजवेवटेन वेताळ आनी लक्ष्मीनारायण, रायेश्वर, शांतादुर्गा, ग्रामपुरूस, महाडेश्वर ह्या देवांच्यो मुर्ती आनी लिंगा देवळाच्या विंगड विंगड वाठारांनी आसात. देवळाची गर्भकुड, मंडप, चौक आनी ताचेखातीर उपेग केल्ल्या लाकडांचेर केल्लें कोरीव काम शिरोडें वाठारांत आसपी मेस्तांच्या समृद्ध आनी लखलखीत दायजाची याद करून दिता. ह्या देवळाचें बांदकाम लेगीत वास्तुकलेचो उत्कृश्ट नमुनो आसा.

हे देवतेचे कुळावी म्हाजन कौशिक, वत्स आनी अत्री गोत्रांचे माध्व संप्रदायाचे, गौड ब्राह्मण सारस्वत आसात. तांचीं मूळ आडनांवां अशीं :

कौशिक गोत्री : केणी, नाईक, रायकार, पै फोंडेंकार, पै रायकार, उजो, हळदुर्गा, पै धूंगट, पै बीर, बाळगी, कोटी.

अत्रि गोत्री : कामत, बुडकुले

वत्स गोत्री : आचारी.

तेभायर श्री शांतादुर्गा देवस्थानांत, कवळेंच्या आठव्या वांगडाचे कौशिक गोत्री कुळावी (श्रीधर पै, पुनरेकर आनी हेर) हांची पालवी देवी श्री कामाक्षी आसा. रायकार उपनांवाचे दैवज्ञ ब्राह्मण, हे देवतेचे पूर्वापार भजक आसात. ते पूर्वापार परंपरेप्रमाण गर्भकुडींत वचून पुजा – अर्चा करतात. ह्या देवस्थानाची वर्सुकी जत्रा माघ म्हयन्यांत जाता. ह्या देवस्थानाची वुर्सुकी जात्रा खूब प्रसिद्ध आसा. ती माघ कृष्ण पक्षांत महाशिवरात्रे दिसा आरंभ जाता आनी फाल्गुन शुक्ल दशमी दिसा सोंपता. खांद्यावयल्या रथोस्तवाची परंपरा आसा. माघ म्हयन्याच्या वद्य १४ च्या रातची रायेश्वर देवाची खांद्यावयल्या रथांतल्यान आनी कामाक्षीची लालखेंतल्यान वांगडाच मिरवणूक शिरोडेचो ग्रामदेव रवळनाथाच्या देवळामेरेन काडटात. ही जात्रा 'शिरोडेंची दिवजांची जात्रा' म्हूण प्रसिद्ध आसा. पुतुगेजांच्या राजवटींत राय गांवांतले हिंदू गोंयच्या विंगड विंगड वाठारांनी गेले. आयज पारोडें, कुडचडें, मळकर्णे, केपें, सांगें, खांडेपार, सावर्डे, सावयवेरें, धर्मापूर, मडगांव, चिंबल सारक्या गांवांनी कामाक्षी देवीचे भावीक आसात. गोंयां भायले भावीक उत्सवाच्या दिसांनी व्हडा चोम्यांनी गर्दी करतात. तेभायर दर म्हयन्याच्या अमाशेक देवळांत मोठो उत्सव जाता. ह्या दिसा फांतोडेचेर काकड आरती जाता, उपरांत तिचें दर्शन घेवपाक सुरवात जाता, परत दनपारां बारा वरांचेर आरती जाता तेन्ना देवीचें दर्शन घेवप जायना. ही आरती सोपल्या उपरांत परत तिचें दर्शनाक सुरवात जाता ती सांजे आठ मेरेन चालू आसता. रातच्या आठ वरांचेर तिची पालखी भायर काडटात. ही पालखेची मिरवणूक देवळा भोंवतणी काडटात आनी आसा तशी तिका आपल्या गर्भकुडींत दवरता आनी भजनाची सुरवात जाता. भाविकांचो तिचेर उपाट स्रद्धा आसा, देखून, श्री कामाक्षी देवीचे दर्शनाक येवपाक भाविकांची उपाट गर्दी जाता. सबंध गोंयांत महिशासूर मर्दिनी देवीची पुजा सांतेर, शांतादुर्गा म्हणून जाता. पूण शिरोड्या मात ही देवी कामाक्षी

म्हणून नामनेक पाविल्ली आसा. कामाक्षी देवीचें मूळ देवूळ साश्टींतल्या राय गांवांतले आशिल्ल्यान, आयज लेगीत राय गांवांतले परंपरा पाळपी क्रिस्तांव भाव (बाटिल्ले हिंदू) आपणाल्या ग्रामदेवीचें दर्शन घेवपाक शिरोड्यां येतात. कर्नाटक, केरळ, महाराष्ट्र, सारकिल्ल्या गोंया भायल्ल्या राज्यांतल्या भावीक कामाक्षी देवीचे दर्शन घेवंक येतात.

– सं. मं.

कामिज्यांव (कामिन्यांव) : पळयात : कार्रेर

कामीण लासप : आदलो एक घरगुती गांवठी उपचार. कामीण (jaundice) म्हणजे रोगजंतूवरवीं पिडा (infection) जातकीर, मनशाचे दोळे, कात, मूत हळडुवें जाता. अशी कामीण जाल्ल्या मनशाची ही पिडा ना करून ताका कामीण – मुक्त करपाक आदल्या काळांत कामीण लासपाचो गांवठी उपचार करप जातालो. ह्या उपचारांत एक धातुचो चमचो घेवन तो उज्यार बरोच तापयता आनी हो तापिल्लो चमचो पिडेकाराच्या हाताचेर दवरून ताची कात लासयता. हाकाच 'कामीण लासप' म्हणटा. अशा तापिल्ल्या चमच्यान हातार केल्ल्या घायांतल्यान जो द्रव व्हांवून आंगाभायर वता तातुंतल्यान पिडेकाराची कामीण बरी जाता असो समज आसा.

खरेंपणी कामीण लासपाचे क्रियेफाटल्यान वैजकी शास्त्राचो आधार दिसना. कातीक केल्ल्या घायांतल्यान कामीण निर्माण करपी जंतूचें वा तांणी निर्माण केल्ले पिडेचें (infection) भायर पडप अशास्त्रीय दिसता. तेभायर हो उपचार एक रानवटी (Crude) प्रकार आसून, ताचे जायते दुश्परिणाम जाता. चमचो तापोवन बळयां केल्या घायान, मनशाक अडेची दूख निर्माण जाता. लाशिल्लो भाग सुजता, त्या भागाची हालचाल करताना मनशाक त्रास जाता. लासून निर्माण केल्लो घायो बेगीन पेखलोना तर तातूंत पूं जावपाची शक्यताय आसता. तो तसो जालो तर तें मनशाचे भलायकेक धोको निर्माण करपी जावं येता.

कामीण निवळावपाचीं आतां जायतीं आधुनीक आनी चड खात्रेचीं वखदां आसात. 'हेपाटायटीस बी' हें एक अशेंच खात्रेचें वासीन आसा. तेभायर खावपा – पिवपाचीं बरे तरेन पथ्यां पाळलीं तर कामीण जावंक पावना आनी जाल्ली कामीण निवळावपाक मजत जाता. आधुनीक खात्रेच्या वखदांची उपलब्धी आनी शिक्षणाचो प्रसार हाका लागून कामीण लासपाचो उपचार आतां साप उणो जाला.

– डॉ. भिकाजी घाणेकार

कामुलकर, जयश्री : (जल्म : १९२२, मुंबय; मरण : ?)

गोंयची एक नामनेची गायिका तशीच अभिनेत्री. ती मूळ पेडणे तालुक्यांतल्या कोरगांव गांवची. तिच्या बापायचें नांव तुकाराम कामूलकर. चित्रपट सृष्टींतल्या राजकमल कंपनीचे मालक व्ही. शांताराम हो तिचो घरकार. तिका दोन चलयो आसात. राजश्री आनी तेजश्री. आनी एक चलो किरण. कामा – धंद्याक लागून तशेंच भुरग्यांच्या शिक्षणाक लागून तिचो बापूय मुंबयत स्थलांतरीत जालो. मुंबयत गेल्या उपरांत जयश्री हिचो जल्म जालो. उपरांत कांय वर्सांनी

ती गोंयांत आयली. आनी कोरगांवांत आपल्या मूळ घरांत धा वर्सां पिरायमेरेन रावली. ह्या इतक्या काळाभितर तिणें आपल्या सुंदर, म्होंवाळ आवाजाचो साद श्रोतांच्या काळजामेरेन पावयलो.

ती जितकी सुंदर गायताली तितकीच ती दिसपांतूय सुंदर दिसताली. तिच्या ह्या कलागुणांक वाव मेळचो म्हणून तिच्या काकान तिका मुंबयत व्हेली. तिच्या गावपांत आनिकूय परिपक्कताय येवची म्हूण 'गमनखाँ' हाची तालीम सुरू केली. तिणें हें गायन मनापसून शिकली. तिका नाटकांत काम करपाक आवड आशिल्ली. पूण त्या काळार प्रत्येक अभिनेतो आनी अभिनेत्रीक ह्या माध्यमांत प्रवेश मेळयतलो जाल्यार ताका / तिका गावपाक येवप सक्तीचें आशिल्लें. हें सगळें समजुपा सारकें तिचें वयूय नाशिल्लें. पूण तरी लेगीत तिच्या १४ वर्सा पिरायेचेर तिका गायन आनी नाट्याची समज आशिल्ली. हें पळोवन, तिका पयलेंच फावट गुजराती चित्रपटांत अभिनेत्रीचे काम मेळलें. गुजराती ही एक वेगळीच भास आनी नाटकाचे वेगळे संस्कार तिणें सहज आत्मसात केलें आनी १४ वर्सा पिरायेचेरूच तिका अभिनेत्री म्हूण नामना मेळली. अशे तरेन तिका एका फाटल्यान एक संदी मेळत रावल्यो. 'यंग इंडिया कंपनी' न तिच्या आवाजान गाणें रेकॉर्ड करपाक सुरवात केली. उपरांत 'चंद्रराव मोरे' ह्या मराठी चित्रपटाची अभिनेत्रीची भुमिका तिका सहज मेळली. त्याचवेळार मास्टर कृष्णराव हाचेकडेन ती गाण्याची रितसर शिक्षण घेताली.

'चंद्रराव मोरे', 'माझी लाडकी', 'नंदकुमार' ह्या चित्रपटांनी तिका सुंदर भुमिका मेळत रावपाक लागल्यो, तेचवांगडा ह्या चित्रपटांक नामनेचे दिग्दर्शक लाबिल्ले. केशवराव धायबर, दादासाहेब तोरणे अशे त्याकाळचे दिग्दर्शक आशिल्ले. कोल्हापूरची प्रभात फिल्म कंपनी पुण्यांत आयल्या उपरांत नव्या विशयांचे चित्रपट हे कंपनीन निर्माण केले. हे कंपनीन आधुनीक तंत्रांचो उपेग केलो. हे प्रभात फिल्म कंपनीचे दिग्दर्शक आशिल्ले व्ही. शांताराम. नवे आव्हानां, नवे विशय समाजामुखार मांडपाचो यत्न व्ही. शांताराम हाणें 'कुंकू' सारकिल्ल्या चित्रपटाच्या विशयांतल्यान केलो. ताच्या दिग्दर्शनाचो खास 'शांताराम टच्' प्रेक्षकांक आवडपाक लागलो. रूपसंपन्न, भिनयसंपन्न आनी म्होंवाळ आवाजाची जयश्री हिका 'प्रभात फिल्म कंपनींत काम करपाची संद मेळली. ह्या कंपनींत येवन तिणें 'शेजारी' ह्या चित्रपटांतल्यान अभिनेत्री म्हूण सुरवात केली. तिचो अभिनय पळोवन तिका आनिकूय चित्रपटांनी संदी मेळत रावल्यो. 'लख लख चंदेरी तेजाची न्यारी दुनिया,' वा 'दिवाळी दिवाळी आली हांसत नाचत खेळत आली' ह्या चित्रपटांत तिणें गायिल्ल्या गाण्यांनी, आनी हांसत, खेळत तिणें केल्ल्या भुमिकेंतल्यान तिका एक समर्थ अभिनेत्री म्हणून प्रेक्षकांनी मान्यताय दिली. तेभायर 'प्रभात फिल्म' कंपनीकय नामना मेळली. पूण दुर्दैवान हे कंपनीक फूट आयली आनी हे कंपनीचे मुखेल सहकारी व्ही. शांताराम हाणें मुंबयत 'राजकमल' ह्या चित्रपट संस्थेची स्वतंत्र निर्मिती केली. राजकमलच 'शकुंतला', 'डॉ. कोटनीस की अमर कहानी,' 'दहेज,' 'परछाई', 'सुबह का तारा', अशे एका परस एक हिंदी चित्रपट गाजले. नवे विशय, नवे कलात्मक तंत्रां, 'शांताराम टच्' व्यक्त करपी साबार तरेचे सीन्स आनी जयश्री ही राजकमलची सौंदर्यसंपन्न नायिका – केन्ना शकुंतलाच्या रुपांत, तर केन्ना 'चिंगलान्'तली चिनी कन्या, तर केन्ना 'दहेज'तली सून म्हूण तिचेर केल्ल्यो भोगावळी भोगपी स्त्री ह्यो सगळ्यो भुमिका जयश्री हिणें उत्कृश्ट रितीन साकार केल्यो. आनी

सगळ्यांत म्हत्वाचे म्हणजे ह्या चित्रपटांतलीं स्वताची गितां तिणें स्वताच गायल्यात.

उपरांत 'मेहंदी', 'दीदी', 'नया संसार दर्शन मला', 'हैदर अली', 'अपना पराया' अशा हिंदी चित्रपटांनी तिणें कामां केल्यात.

तिचो जल्म जरी मुंबयत जालो तरी तिणें जल्माक येतना गोंयचो सगळो सोबीत-सुंदर असो सैम घेवन ती आयली. एक चली, एक अभिनेत्री म्हूण तिणें आपली भुमिका चालू दवरलिना, तर एक घरकान्न आनी एक आवय म्हूण तिणें आपली भुमिका साकारली. सध्या तिचो पूत किरण आतां किरण व्ही. शांताराम ह्या नात्यान राजकमल स्टुडिओचो व्याप सांबाळटा.

– सं. मं.

कायकिणी, गौरीश विठ्ठलराव : (जल्म : १२ सप्टेंबर १९१२, गोकर्ण – कायकिणी, कर्नाटक मरण : २०००)

कन्नड साहित्यमळावेलो नामनेचो लेखक जाल्लो कोंकणी मनीस. ताच्या बापायचें नांव विठ्ठलराव आनी आवयचें नांव सीताबाय. बायलेचें नांव शांता आनी पुताचें नाव जयंत. गौरीश कायकिणी तीन म्हयन्याचो आसतनाच ताच्या बापायक मरण आयलें. तो स वर्सांचो आसताना ताचें आवयक मरण येतकीर ताची मावशी सावित्रीबाय हिणें ताचें पालन केलें. १९५३ वर्सा कायकिणीन शांताबाय नांवाचे चलयेकडेन आंतरजातीय लग्न केलें. ताणें गोकर्णांत प्राथमीक आनी कुमटा गीब्ज स्कुलांत माध्यमीक शिक्षण घेतलें. कर्नाटक कॉलेजांत इंटरमिजीएट जाले उप्रांत ताणें एस्. टी. सी. परिक्षा पास केली. १९३७ वर्सा कायकिणी हाणें गोकर्ण वाठारांतल्या ए. व्ही. स्कूल हांगा शिक्षक म्हण काम केलें. १९३९ वर्सा सांवन गोकर्ण लागसार आशिल्या बंकिकोड्ल गांवांत माध्यमीक शाळेंत शिकोवपाक लागलो. तशेंच १९४४-४५ वर्सा तो एस्. टी. सी. परिक्षेंत मुंबय इलाख्यांत पयल्या क्रमांकान पास जालो.

कायकिणी हाणें 'जनसेवक' ह्या सातोळ्यांत सातत्यान १७ वर्सां संगीत, नाटक, राजकारण,

मानसशास्त्र, पुस्तक परिक्षण, साहित्यावलोकन अश्या विशयांचेर बरप केलां. तशेंच ताणें कथा, कादंबरी, कविता, जिवन चरित्र, इतिहास, संशोधन हेंवूय विशय हाताळ्ळ्यात.

डॉ. अ. न. कृष्णराय, डॉ. मास्ती वेंकटेश अय्यंगार, दिनकर देसाय, डॉ. द. रा. बेंद्रे हांचेर ताणें लेख बरयल्यात. ताणें मराठी, हिंदी, इंग्लीश आनी संस्कृत साहित्याचो कानडींत अणकार केला. ताणें कोंकणींत आनी मराठींत बरयल्लीं नाटकुलीं, कविता, उलोवपां हांची धारवाड आकाशवाणी केंद्राचेर वितरावणी जाल्या.

१९५४ ते १९७६ मेरेन ताणें गोकर्ण भद्रकाळी हायस्कुलांत शिकोवपाचो वावर केला. उपरांत

४ एप्रील १९७६ वर्सा तो निवृत्त जालो. १९७५ ते १९७६ ह्या काळांत तो धारवाड आकाशवाणी केंद्राच्या सल्लागार समितिचो वांगडी आसलो.

ताच्या बरपांत स्वतंत्र विचार, मानवतावाद, साहित्याचो खोलायेन अभ्यास, शब्दावळिवेलो ताबो, सुंदर भाशाशैली पळोवंक मेळटा. आपलें जाण्टे पिरायेंत लेगीत ताणें कन्नड आनी कोंकणींत बरप केल्लें. कायकिणी, हाचें पयलें लिखाण मराठी लिपींत उजवाडाक आयिल्लें. (शांडिल्य महाराजाविशीं भक्तिगितां– भजनावळ) तिसऱ्या दशकाच्या पयल्या अर्दांत ताणें कन्नड भाशेंत 'भक्त मीरा' हें पुस्तक बरयल्लें. उपरांत 'जयंती', 'जय कर्नाटक', 'उदयवाणी', 'शिरसी समाचार', 'नागरीक', 'मुन्नडे', 'प्रपंच', 'जीवन', 'कस्तूरी', 'तरंग', 'सुधा', 'बेळकु' ह्या नेमाळ्यांनी आनी अंकांनी ताचें जायत्या विशयावेलें लिखाण उजवाडाक आयिल्लें.

तशेंच 'मनोविज्ञानद – रुपरेशेगळु' नव्यदनालकु नायकरू नवमानवतावदे ओलविना ओगटु', 'मार्क्सवाद', 'देवतात्मे,' 'बळिनगुट्ट', 'केशवसुत', 'नानालाल', 'पंजाबीकधेगळु', 'माण्णिन मनुष्य', 'श्यामराव विठ्ठल कायकिणी', 'थॉमस एडिसन', 'बाळिंदु बंतु गंगेय तडिगे', 'क्रौंचध्वीन' अशीं जायतीं पुस्तकां उजवाडाक आयल्यात. तशेंच ताची 'कन्नड साहित्याचा इतिहास,' 'माझी रसयत्रा' आनी 'अग्नीवर्ण' हीं तीन पुस्तकां मराठींत उजवाडाक आयल्यात. जायत्या गौरव ग्रंथांनी ताचें अभ्यासपूर्ण लेख उजवाडाक आयल्यात.

'मानव्यकवी' आनी 'मिनाक्षी' हे ताचे दोन कवितासंग्रह आसात. १९७३ वर्सा ताका कन्नड जिल्ल्याच्या कन्नड साहित्य संमेलनाचें अध्यक्षपद दिवन ताचो भोवमान केलो. त्याच वर्सा कर्नाटक सरकाराचो कायकिणीक, 'आदर्श शिक्षक' हो पुरस्कार फाव जाल्लो. १९७९ वर्सा डॉ. शिवराम कारंत हाच्या यजमानपणाखाला ताचो जाहीर सत्कार करून ताका गौरव ग्रंथ (निलांजन) अर्पण केलो. ताका मेळिल्ले हेर भोवमान अशे आसात. प्रोग्रेसीव म्हैसूर पत्रिका मंडळाचें वांगडीपण (१९६४), कर्नाटक विश्व विद्यालय व्यासंग विस्तरण विभागाचो सल्लागार समितिचें वांगडीपण (१९६५–७०), कन्नड साहित्य परिषद (बेंगळूर) गौरव वांगडीपण, १९७३–८३), कर्नाटक साहित्य अकादमी पुरस्कार (१९८८), वर्धमान साहित्य पुरस्कार (१९९१), कर्नाटक राज्योत्सव पुरस्कार (१९९३), कर्नाटक विश्वविद्यालयाची गौरव डॉक्टरेट.

– डॉ. जयवंत नायक

कायकिणी, जयंत गौरीश : (जल्म : २९ जानेवारी १९५५–गोकर्ण–कर्नाटक) कन्नड साहित्यांत नामना जोडिल्लो कोंकणी मनीस. ताचो बापूय गौरीश कायकिणी हो एक जेश्ट कन्नड आनी कोंकणी साहित्यीक आसलो. बापूय आनी पुतान साहित्याचे हेर प्रकार हाताळले आसले तरी दोगांचोय पींड कविचो. जयंतान कवितेइतकीच कथेंतय नामना जोडल्या.

ताचें प्राथमीक शिक्षण गोकर्णांत जालें. कुमटा शारांतल्या म्हाविद्यालयांत बी. एस. सी. पदवी घेतले उप्रांत, धारवाडांत कर्नाटक विश्वविद्यालयांतल्यान ताणें जीव रसायन शास्त्रांत एम्. एस्. सी. चें पदव्युत्तर शिक्षण घेतलें. विक्स फार्मास्युटिकल्स कंपनींत तेवीस वर्सां मुंबय रावून उप्रांत बेंगळुरा येवन 'भावना' हे कन्नड पत्रिकेचो संपादक जालो. वांगडाच झी टी वी,

ई टी वी सारक्या प्रसार माध्यमांतय सल्लागार जावन काम केलें. चल चित्रांखातीर कथा लेखन, संवाद लेखन आनी गीत लेखन केलें.

कथा, कविता, नाटक, निबंध धरून ताचें सुमार १८ ग्रंथ प्रकाशीत जाल्यात. तातूंत ताणें केल्ल्या अणकारांचोय आस्पाव आसा.

'तेरेदष्टे बागिलु,' 'दगडु परबन अश्वमेध,' 'गाळ,' 'अमृत बळ्ळिकषाय,' 'बण्णद कालु' आनी 'तुफान मेल' हे कथासंग्रह. 'जयंत कायकिणी कथेगळु' नांवान ताचो समग्र कथा संग्रहय उजवाडाक आयला. 'रंगदिंद ओंदिष्टु दूर,' 'श्रावण मध्यान,' 'नीलिमळे,' 'रुद्रपाद्दल्लि बिट्ट हेज्जे,' 'कोटि तीर्थ' आनी 'ओंदु जिलेबि' हे तागेले कविता संग्रह. बोगसेयल्लिमळे आनी शब्दतीर हे ताचें निबंध संग्रह. हूहुडुगि (मूळ पिग्मीलियन), 'इति निन्न अमृत' आनी 'आकाश बुट्टि' हे नाटक संग्रह.

ग्रंथ – साहित्या वांगडाच चित्रपट – साहित्याची (पटकथा, संवाद, गीत) निर्मिती हें ताणें कन्नड चित्रपटाक दिल्लें खाशेलें योगदान आसा. सुमार शंभरेक चित्रपटांक ताणें हें योगदान दिलां. 'चिगुरिद कनसु', 'द्वीप', 'पूर्वापर', 'रम्यचैत्रकाल' आनी 'मुंगारु मळे' ह्या चित्रपटांखातीर ताका राज्य पुरस्कार आनी हेर चित्रपट संस्थाचे पुरस्कार प्राप्त जाल्यात.

सामान्यांतल्या सामान्य लोकांची जिवितधारा आनी ताचें भावनाविश्व हांचो आधारभूत जावन आशिल्लें ताचें साहित्य तातुंतले सोपे भाशेक आनी आगळे शैलीक लागून कन्नड भाशिकांमदीं लोकप्रिय जालें. ताका राज्य साहित्य अकादमी पुरस्कार, बी. एच. श्रीधर आनी दिनकर देसाय संस्मरण पुरस्कार, दिल्लीचो 'कथा' पुरस्कार, फाव जाला.

– डॉ. गीता शेणै

कायकिणी, (पं.) दिनकर : (जल्म : १९२७) – शास्त्रीय संगितांतलो ज्येश्ट संगितकार आनी साधक आशिल्लो कोंकणी मनीस. ताणें आपले पिरायेच्या सातव्या वर्सासांवन संगिताच्या अभ्यासाक सुरवात केल्ली. फुडें पटियाला घराण्याचे पंडित केरेकेट्टे नागेशराव हाचेकडेन ताणें संगिताचें रितसर शिक्षण घेवंक सुरवात केली. उप्रांत ग्वाल्हेर घराण्याची स्वतंत्र गायन शैली आत्मसात केल्लो पंडित ओंकारनाथ टागोर हाचेकडेन ताणें संगिताचें शिक्षण घेतलें. ह्याच घराण्यांतलो आनीक एक गायक पंडित राजा–भैया पूंचवाले हाचोय पंडित दिनकराचे गायन शैलिचेर प्रभाव पडला. फुडाराक जेन्ना पद्मभुषण पंडित एस्. एन्. रतन्जनकर हाचें हाता सकयल संगीत विद्या शिकपाची संद मेळली तेन्ना ताका उत्तर



भारत संगितांतलो भाव विस्तार आनी उतर अर्थाचें बरें गिन्यान प्राप्त जालें.

१९४३ त ताणें संगितांतली पदवी घेतली. ताका तेन्ना 'ख्याल' गायकिंतलें भांगरा पदक मेळिल्लें. संगितकारांकडसून तशें अधिकृत पदवी शिक्षण घेतले उप्रांत ताणें संगिताच्यो स्वतंत्र कार्यावळी करूंक सुरवात केली. मंगळुरांतल्या सुमार एका वर्साच्या राबित्यांत ताणें श्री. व्यंकटेश पै हाच्या द्वारिके चोरी

आनी 'मौर्य ज्योती' ह्या कन्नड नाटकांतल्या ताणें दिल्ल्या संगिताची लोकांनी भोवच तोखणाय केली. हें संगीत आयकल्लो कन्नड नाटककार गुब्बिविरण्णा खुपूच प्रभावीत जावन ताणें दिनकराक शाबासकी दिली. ख्याल गायक पंडित रवी शंकर हाचो सहयोगी जावन ताणें 'डिस्कवरी ऑफ इंडिया' ह्या ख्याल बॅलेंत दिल्ल्या ताच्या संगितान ताका भोवच नामना जोडून दिलीं. कर्नाटकांतल्या 'चित्रदुर्गा' हांगा संगीत साधना करताना, कुडली श्रृंगेरी मठावतीन ताका 'संगीत मार्तांड' हो किताब दिवन ताचो भोवमान जालो. दिनकरान सुमार सतरा वर्सां दिल्ली आकाशवाणी केंद्राचेर संगीत विभागांत काम केलें. हांगा ताणें वेगवेगळ्या भासांनी सुमार ८०० संगीत रचना घडयल्यो. उप्रांत तो मुंबयच्या भारतीय विद्याभवनांत नाच आनी संगीत विभागांत काम करूंक लागलो. १९७४ वर्सा भारत सरकारावतीन युरोपियन देशांत आनी युगोल्सोवाकिया, पश्चीम बर्लिनांत संगीत कार्यक्रम ताणें केल्या. १९८१ त अमेरिका, कॅनडा आनी लंडनाक, १९८३ वर्सा सिंगापूर आनी मलेशिया हांगा ताणें संगीत विद्येसंबंधी व्याख्यानाच्यो कार्यावळी केल्या.

'गुणरंजनि', 'भूपावली', 'गगन-विहंग्र', 'खेम-ध्वनी' अशा स्वतंत्र रागदारींत केल्ल्यो ताच्यो सुमार १५० पदां-निर्मिती आसात. दिल्ली, मुंबय, जोधपूर, पुणे, हांगचे एस्. एन्. डि. टी. विश्वविद्यालयाचे तशे दिल्ली गंधर्व विद्यालयाचे संगीत अभ्यासक्रमाचे समितीचे वांगडी आनी परिक्षक म्हणून ताणें काम केलां. ताचें हिंदुस्तानी संगिताचेर आधारीत संगीत रागदारी सयत 'संपुर्ण संगीत दर्शन' नांवाच्यो संगिताची वळख करून दिवपी ६ कॅसिटी आयल्यात.

– सिद्धापुर वासुदेव भट्ट – कार्कळ

कायकिणी, श्यामराव विठ्ठल : (जल्म : १८४२ मुर्डेश्वर-कर्नाटक; मरण : १९०५ सांताक्रूझ, मुंबय-महाराश्ट्र).

एक व्रिद्वान वकील, कुशल प्रशासक, बँकिंगचे प्रवर्तक आनी आदर्श समाज सुधारक कोंकणी मनीस.

ताचें प्राथमीक शिकप होन्नावर हांगा जालें. इंग्लीश आनी मराठीचें शिकप घरचे घरा जालें. १८५९ वर्सा असिस्टंट कलेक्टर वेड्डरबर्न, आय्. सी. एम्. हाच्या हातासकयल कारकुनाच्या कामाक सुरवात करून उप्रांत मुंबयत हायकोर्टाचे नामनेचे वकील ॲड. शांताराम पाटणकर हाचेंकडेन कारकुनी केली. ताचें इंग्लीश आनी कन्नड भासांवयलें प्रभुत्व पळोवन हायकोर्ट न्यायाधीश रेमंड हाणें ताची हायकोर्टाचो

दुभाषी म्हणून नेमणूक (१८५९-१८६६) केली. फुडें ताणें वकिलिचो अभ्यास करून पदवी प्राप्त केली आनी हायकोर्टांत वकिली सुरू केली आनी वकिलिच्या मळार आपली अशी खाशेली सुवात निर्माण केली. 'बाँबे हायकोर्ट रिपोर्ट' आनी (१८७०) आनी 'इंडियन रिपोर्ट, बाँबे सिरीज' (१९०५) ह्या कायदेसंबंधीत रिपोर्टांनी ताणें ह्या मळार केल्ल्या

उत्कृश्ट कार्याची तोखणाय पळोवंक मेळटा.

त्याच्या फुडाराकाराखाला १९०४ वर्सा सहकारी सोसायटी स्थापन जाली. हे सोसायटीचो विस्तार म्हणजे आयज नांव जोडिल्ली 'दि श्यामराव विठ्ठल सहकारी बँक' आसा. उत्तर कर्नाटकांत उद्योगीक मळावयले प्रवर्तक ले. वे. क्रिस्टल हाच्या सांगाताक कापूस–गिरणीच्या उद्योगाक ताणें चालना दिली. तशेंच उप्रांत 'म्हैसूर स्पिनींग आनी मॅनुफॅक्चरींग लिमिटेड', 'कर्नाटक जिनींगप्रेस', सदर्न मराठा स्पिनींग अँड विवींग कंपनी (हुबळी), 'लॉरड्रे मॅनुफॅक्चरींग कंपनी' (बाँबे) ह्या आस्थापनाचो संचालक म्हणून ताणें ह्या मळार आपलें योगदान दिलें. ठाणे जिल्ल्यांतल्या बेलापुरांत मिठाचे आगर निर्माण करपांतय ताणें फुडाकार घेतलो. बाँबे विश्वविद्यालयांत सिंडिकेट मेंबर, तशें कायदो विभाग आनी हेर समितिंचेर रावून ताणें खूप बरें काम केलां. ताची ग्रंथसंपदा सुमार १०,००० पुस्तकांची आसली. हातूंत वेगवेगळ्या विशयांवयलीं दुर्मीळ अशीं जायतीं पुस्तकां आसलीं. ताच्या मरणाउप्रांत हीं पुस्तकां ताच्या घरच्यांनी बाँबे विश्वविद्यालयाक दान केलीं.

श्यामरावाच्या प्रयत्नांक लागून बाँबे विश्व विद्यालयांत एम्. ए. परिक्षेक कन्नड विशय घेवपाक मान्यताय मेळ्ळी. तेवेळच्या प्रसिद्ध 'निर्णय सागर प्रेस' हांगा कन्नड विभाग सुरू करपाक ताणें चालना दिली. तेभायर 'भारति छापखानों,' 'कर्नाटक प्रेस', 'धारवाड्चो कर्नाटक विद्यावर्धक संघ,' 'मुंबयचें, 'केनरा क्लब अतिथी घर' (फुडें ही संस्था केनरा सारस्वत असोशियेशन म्हणून मुखार आयली) ह्यो संस्था तांच्या फुडारपणान सुरू जाल्यो. 'कन्नड सुवार्ते' हे पत्रिकेचें संपादन करून ती पत्रिका ताणें जनप्रिय केली. 'विधवा पुनर विवाह', 'अंधश्रद्धा निर्मुलन,' 'धर्मांतर विरोध' अशा साबार सामाजीक चळवळिंनी ताणें सक्रीय वांटो घेतलो. संस्कृत भाशेंत ताणें 'वेंकटाध्वरिगेले विश्व गुणादर्श चंपू' आनी 'पराशर माधवी' (पराशर स्मृती टिका) हे दोन ग्रंथ प्रकाशीत केले. मुंबय हायकोर्टाचे अपेल्लेट विभागाच्या बार–रुमांत श्यामराव हाचें तैलचित्र लावन ताच्या कार्याचो भोवमान केला.

– अरुण उभयकार

कायलया दोळो : पळयात : आसाळो

कायलोळ्यो : उकडे तांदूळ, सुयर तांदूळ, सोय आनी मीठ घालून केल्ल्या पदार्थाक कायलोळ्यो म्हणटात.

साहित्य : २ वाटी उकडे तांदूळ, १ वाटी सुरय तांदूळ, $\frac{१}{२}$ वाटी सोय, १ चमचो मीठ.

रीत : उकडे तांदूळ आनी सुरय तांदूळ आदले दिसा रातचे भिजत घालचे. दुसऱ्या दिसा सकाळीं हे तांदूळ बरे धुवचे आनी कातिल्ल्या सोयेवांगडा मिक्सरांत घालून वांटून घेवचे. दाटशेंच वाटचें. पातळ करचे न्ही वांटून जाल्या उपरांत मीठ घालचें. उपरांत तवो तापत दवरचो. तवो तापल्या उपरांत अर्द चमचो तेल तव्यार सोडचे आनी एका दवल्यान एका फाटोफाट दोन दवले पीठ गोल आकारान घालत वचचें. घातल्या उपरांत हाचेर मातसो दवल्यान फेरो थंयच्या थंयच मारचो. तांचो आकार वाडोवचो न्ही. उपरांत ताचें भोंवतणी तेल सोडचे, धापणें धापचे. दोन – तीन मिनटांनी धापणें काडचे. ह्यो कायलोळ्यो

कायल्यात्यान परतुच्यो आनी २ मिनटांनी काडच्यो. आनी सकाळीं वा सांजेवेळार च्यायेकडेन हुनहुनीत खावच्यो.

कोंकणींत 'कायलोळ्यो करता' आनी 'कायलोळ्यो करूं नाका' अशे दोन वाक्प्रचार आसात. जेन्ना कोणय निश्चीत अशें सांगनासताना घोळोवन वा आरतें परतें (कायलोळ्यो परतुच्यो तशें) सांगता तेन्ना हो वाक्प्रचार वापरतात.

– सं. मं.

कायळो : पळयात : कावळो

कार्कळ : कर्नाटकांतल्या उडुपी जिल्ल्यांतलें एक तालुका केंद्र. ह्या वाठाराक एक खास इतिहासीक, धार्मीक तशें सांस्कृतीक म्हत्त्व आसा. कदंब, चालुक्य, राष्ट्रकूट, आळूप, होय्सळ आनी विजयनगरची हांगा केन्ना ना केन्ना राजवट चल्ली. जैन धर्मप्रेमी राजवटींत हांगा जैन धर्माचो प्रभाव वाडलो. तशेंच जैन वास्तू स्मारकांय उबीं रावलीं. वीर भैररस राजान हांगचे हिरियंगडींत 'तेमिश्वर बसदि', पांडयप्प वोडेय (वीर पांडय (१४२०–१४५४) हाणें गोम्मटु अभिनव पांडय देव केडे (१४५५–१४७५) हाणें हिरियंगडी मान स्तंभ, इम्मडि भैररस हाणें चतुर्मख बसदि आनी हेर जैन राजांनी श्रवण बसदि, आतेकेरे बसदि हांची निर्मिती केली.

तुळू जानपद इतिहासाचो मुखेल आराधना संप्रदाय जावन आसलें 'सिरी आराधना केन्द्रावरवीं हांगचे नंदलिके उर्किदोट्ट, दरेगुड्डे, कणजार हांचें नांव जालें. हांगा आलडे वाठारांत वर्सुकी 'आयन' वा 'सिरी जात्रा' जाता.

कार्कळाच्या परिसरांत शिल्पकृतीक फाव तसल्यो काळ्यो शिळो (खंडपां) मेळटात. हाका लागून हांगा शिल्पकलेक बरीच चालना मेळूंक पावली आनी हांगा शिल्पकलाकारय निर्माण जाले. ताचें मर्दी रेंजाळ गोपाल शणै आनी श्यामराय आचार्य हाणें हे कलेंत राष्ट्रीय पांवड्यार नामना जोडल्या. धर्मस्थळ हांगा उबें केल्लें बाहुबलीचें व्हड शिल्प ही रेंजाळ गोपाळ शेणैची कलाकृती आसा. मंगळूर विश्वविद्यालयान ताका मानद (गौरव) डॉक्टरेट दिवन ताचो भोवमान केला. शिल्पकार श्यामराय आचार्य हाका कर्नाटक सरकारान 'जकणाचार्य' प्रशस्ती दिवन ताचो सन्मान केला. ह्या परिसरांत आशिल्लीं कांय शिल्पां भोवच मोलादीक आनी राश्ट्रीय नामनेचीं आसात. सकयल दिल्ल्या प्रार्थना थळां संबंधांत कांय शिल्पांची हांगा वळख दिल्या.

गोमटेश्वर : कार्कळ शारासांवन दोन किलोमिटराच्या अंतरार आग्नेय दिकेक गोम्मटबेट्ट आसा. ह्या बेट्टार ४२ फूट उंचायेचो एक आंगी (एकाच फातराचो) गोमटेश्वराची सोबीत मूर्त आसा. हांगा जावपी मस्तकाभिशेक भारतभर प्रसिद्ध आसा.

चतुर्मूख बसदि : कार्कळाचे १८ बसदिंतली एक कलात्मक बसदी. हिका 'त्रिभुवन चैत्यालय' म्हणटात. एके पिठिकेवयले १२ मुर्तींमदल्या तीन मुर्तींचेर सगळें शिल्प प्रतिष्ठायीत जाला. १०८ शिलास्तंभार ही बसदी निर्माण जाल्या.

अनंत शयन देवस्थान : दक्षीण भारतांतले एक प्राचीन आनी सोबीत देवस्थान. हांगच्या अनंत पद्मनाभाची मूर्त १० फूट रुंद आनी ८ फूट लांबयेची एका फातराची आसा.

वेंकटरमण देवस्थान : कार्कळच्या वेंकटरमण

देवळाक 'पडु तिरुपती' म्हणून वळखतात. हें देवस्थान गौड सारस्वत समाजाचें १४ व्या शतमानासांवन आराधना केंद्र जावंन आसा. हांगा 'श्रीनिवास' आनी 'वेंकटरमण' अशे दोन देव भजतात. हांगच्या गरुडामंटपाचे रेंजाळ गोपाळ शेणैन निर्माण केल्ले चार शिल्पस्तंभ अप्रतीम आसा. हांगचो कार्तीक म्हयन्यांत पुनवेचो लक्षदीपोत्सव खूप प्रसिद्ध आसा.

हिरियंगडी : जैन राजान स्थापन केल्ली तेमीनाथ बसदी, महामान स्तंभ आकर्शक आसा. हांगा भुजबली ब्रह्मचार्याश्रम, प्राथमीक आनी पौढ शाळा आसात.

शिवती केरे : हिरियंडी लार्गीच शिवती केरे हांगां 'शंभुलींग' देवस्थान आसा. हाका 'उमा-महेश्वर' म्हणनूय वळखतात.

अत्तूर सँट लॉरेन्स चर्च : कार्कळासांवन ४ किलोमिटर अंतराचेर सँट लॉरेन्स चर्च ही किरिस्तांव समाजाचें एक मुखेल प्रार्थना स्थळ. हांगा दर वर्सा जानेर म्हयन्याचे अखेरेक तीन दिसाचें वर्सुकी फेस्त जाता. ही फेस्ताची परंपरा १८९५ सालासांवन चालू आसा अशें जाणकारांचें मत आसा. ह्या फेस्ताक किरिस्तांवां वांगडाच हिंदू लोकय व्हड संखेन वचून प्रार्थना करता.

वयर दिल्ल्या प्रार्थना - थळांभायर आनिकय अशीं थळां आसात ती अशीं. पेर्वाजे महालिंगेश्वर, रामसमुद्र परिसर मुख्यप्राण महामायी देवस्थान, वीर मारुती देवस्थान, विनायक बेट्टू सिद्धीविनायक देवस्थान, राघवेंद्र मठ नेक्ला जीकाळिकाम्बा देवस्थान, उच्चंगी मरियम्म देवस्थान.

शिक्षणाच्या मळार जायत्यो शिक्षण संस्था हांगा कार्यरत आसा. १८८० सालांत, 'बोर्ड हायस्कूल' ह्या नांवान सुरू जावन आता ज्युनियर कॉलेज जाल्ली संस्था हांगा कार्यरत आसा. श्री वेंकटरमण देवस्थानावतीन श्री वेंकटरमण कन्या प्रौढ शाळा, ज्युनियर कॉलेज आनी महिला कॉलेज ह्यो संस्था स्थापन करून बायलांच्या शिक्षणाक प्रोत्साहन दिलां. मणिपाल अकादमी ऑफ जनरल एज्युकेशन संस्थेचें भुवनेंद्र कॉलेज, मंजुनाथ पै स्मारक बी. बी. एम्. हें सरकारी कॉलेज हांगा चलता. तेभायर भुवनेंद्र प्रौढ शाळा, क्रैस्त - कींग प्रौढ शाळा, जैन हायस्कूल, पेर्वाजे सुन्दर पुराणीक प्रौढ शाळा, भुवनेंद्रवसती प्रौढ शाळा ह्योय संस्था विद्यादानाचें कार्य करतात. तशेंच निट्टे विद्यासंस्थेवतीन प्रौढ शाळा, ज्युनियर कॉलेज, पदवी कॉलेज, पोलिटेक्नीक, इंजिनियरींग, एम्. सी. ए., एम्. बी. ए. अशा साबार वेवसायीक विभागांतलें शिक्षण दिवप चलता.

१९२० च्या सुमारक बाळ गंगाधर टिळक हाणें सुरू केल्ले राश्ट्रीय भावनेच्या प्रभावाखाला, तशेंच महात्मा गांधीच्या 'क्विट इंडिया' आनी 'मिठा सत्याग्रह' चळवळींत सहभागी जावंन योगदान दिलां. तातूंत एम्. डी. अधिकारी, के. व्यंकटेश प्रभू, रंगनाथ प्रभू हांचो मुखेलपणान आस्पाव जाता.

कार्कळांत, कन्नड साहित्याक योगदान दिल्ल्या मर्दीं तंदलिकेलक्ष्मीनारायणप्पा (मुद्दण) आनी कवी रत्नाकर तशेंच यदुरचंद्रम हांचो उल्लेख जाता.

कार्कळांत नाल्ल, खोबरेल, लाकूड-चिरप, काजू मोवलो, विडयो हांचो वेपार व्हड प्रमाणांत चलता.

- सिद्धापुर वासुदेव भट-कार्कळ

कारंथ, कोट शिवराम : (जल्म : १० जानेवारी १९०२, कोट - दक्षीण कन्नड जिल्लो. मरण : ?)

एक नामनेचो कन्नड नाटककार, कादंबरीकार, निबंधकार आनी कलेचो जाणकार. ताचें शाळेंतलें शिकप कोट आनी कुंदापूर गांवांत जालें. महाविद्यालयांतलें शिक्षण घेवपाक तो मंगळूर गेलो. ताणें गांधीवादी विचारसरणेच्या प्रभावाक लागून शिक्षण चालू आसतनाच स्वतंत्रतायेचे चळवळींत वांटो घेतलो. गांधीजीच्या विचारांकडेन फुडें ताचे मतभेद जाले आनी पुत्तूर गांवांत बालवन नांवाच्या भुरग्यांची शाळा उक्ती करून ताणें भुरग्यांक पदां, नाटकां, खेळ हांचेवांगडा हेर शिक्षण दिलें. ह्या काळांत ताणें बऱ्याच बालसाहित्याची निर्मणी केली. ताणें ह्या वेळार साहित्य संमेलन, वैचारीक संमेलन आनी यक्षगानाचे मेळावेय घेतले.

१९२४ वर्सा ताणें बरोवंक सुरवात केली. 'राष्ट्रीय सुधारक' हें ताचें पयलें पुस्तक उजवाडाक आयलें. 'विचित्रकूट' ही ताची पयली कादंबरी. उपरांत ताणें 'चोमनदुडि', 'मुगिदयुद्ध', 'बेट्टद जीव', 'कुडियर कुसू', 'स्वप्नद होळे', 'मराठी माळिगे', 'औदार्यद उरूळल्लिम,' 'मूजन्मम' तशेंच मैमंनगळ,' 'गोंडारण्य,' 'सुळियल्ल,' 'धर्मरायन संसार,' 'अळिदमेले' ह्यो कादंबऱ्यो बरयल्यो. हे भायर ताणें 'गर्भगुडी,' 'बित्तिदबेळे,' 'जंबद जानकि' अशीं बरींच नाटकांय बरयलीं. भुरग्यांखातीर ताणें 'सिटिगन्नड' अर्थकोश (शब्दकोश) बरयलो. 'ग्रान', 'मैलिकल्लिबोडने मातुकते' हे ताचें कांय ललित प्रबंध. कर्नाटकांतलो लोकांखेळ 'यक्षगान' विशीं ताणें खोलायेन अभ्यास करून 'यक्षगान' हो महाप्रबंध बरयलो.

ताचे 'मरळि मण्णिगे' हे कादंबरीचे इंग्लीश, हिंदी, तामीळ ह्या भाशांनी अणकार जाल्यात. 'चोमनटुडि' हे कादंबरीचेर आदारीत बी. वी. कारंत हाणें निर्देशन केल्ल्या चित्रपटाक भारत सरकाराचें 'स्वर्णकमल' फाव जालां.

१९७१ त 'यक्षगान कलाकेंद्र' ही संस्था स्थापून ल्हान भुरग्यांक ताणें यक्षगानांत केल्ले बदल शिकयले. पारंपारीक यक्षगानांत आशिल्लीं गीतां, रंगभूषा, भेस, संभाशण ह्यो गजाली काडून उडोवन मुकाभिनय, वाद्यसंगिताचेर नवो यक्षगान शिकोवन कारंतान देश आनी विदेशांत ताचे बरेच प्रयोग केले. 'डुमिंगो' आनी



'भूतराज्य' हे दोन चित्रपट ताणें स्वता काणी, गीतां बरोवन आनी स्वताच कॅमेरामन आनी निर्देशकाची जापसालदारकी घेवन निर्मिले. कांय वर्सां उपरांत ताणें अशाच प्रकारचो 'मलेयमवगळु' हो चित्रपट आपल्या 'सुडियर कू डि' हे कादंबरीचेर आदारून निर्मिलो. हातुंतूय गीतां, संगीत, संवाद, चित्रकथा, निर्देशन आनी कॅमेरा ताचोच आशिल्लो. १९७३ वर्सा म्हैसूर विश्वविद्यालयान ताचें चरित्र इंग्लिशिंतल्यान उजवाडायलें. कारंत हाणें संवसारभर भोंवडी केल्या आनी कांय भोंवडेवर्णनां उजवाडायल्यात. १९७७ त आणिबाणिक विरोध करून ताणें स्वताक मेळिल्लो. 'पद्मभूषण' पुरस्कार सरकारान परत केलो. ज्ञानपीठ पुरस्कार मेळ्ळ्या उपरांत ताचो बरेचकडेन सत्कार

जालो. कर्नाटक विश्वविद्यालय आनी म्हैसूर विश्वविद्यालयान डॉक्टरेट दिवन ताचो भोवमान केलो. साहित्य मोग्यांनी ताचेर 'कारंत प्रपंच' गौरव ग्रंथ जवाडायलो. 'यक्षगान-बयलाट' ह्या ग्रंथाक ताका स्विडीश अकादमी पुरस्कार तशेंच केंद्र साहित्य अकादमीचो पुरस्कार फाव जालो. 'मुकाज्जिय कानसुगळु' (मुकाज्जियाची सपनां) हे कादंबरीक १९७८ त ज्ञानपीठ पुरस्कार फाव जालो. १९८९ वर्सा ताणें दक्षीण कन्नड जिल्ल्यांतल्यान पर्यावरणाची जतनाय करपी पंगडाचे वतीन लोकसभेची वेंचणूक लडयली. आर्विल्ल्या कन्नड साहित्यांत वास्तववादी आनी मानवतावादी लेखक आनी समाजांत एक व्हड पर्यावरण मोगी आनी विचारवंत म्हूण कारंथ हाका मानाची सुवात आसा. गोंय विद्यापिठांत प्रकाशीत केल्ल्या कोंकणीतल्या पयल्या विश्वकोशाच्या पयल्या खंडाचें ताच्या हस्तुकीं विमोचन जाल्लें.

– सं. मं.

कारंद : पळयात : कारांदो

कार्दोज, तोमाझिन्यु : (जल्म १४ एप्रील १९४६, पोंबुर्पा – गोंय)

गोंयच्या कला मळावयलो, विशेश करून तियात्र मळावयलो, एक नांवाजतो कलाकार. कोंकणी साहित्यकार आनी कोंकणी चळवळींतलो एक जाळवणदार. ताचें पुराय नांव लँबर्ट थॉमस कार्दोज.

ताणें एम्. ए., बी. एस्सी., आनी बी. एड. मेरेन शिकप घेतलें. ताणें डायोसिशन सोसायटी ऑफ एज्युकेशन हे संस्थेंत शिक्षक आनी मुख्याध्यापक म्हणून, गोंयच्या वेगवेगळ्या स्कुलांनी ३४ वर्सां शिक्षण दानाचें कार्य केलें.

ताचीं आतांमेरेन कोंकणी (रोमी आनी नागरी लिपींतलीं) आनी इंग्लीश भाशेंतलीं २१ पुस्तकां उजवाडाक आयल्यांत. ताणें बरयल्लीं रोमी लिपींतलीं पुस्तकां अशीं आसात.

तियात्र (रोमी) : 'कांटेच कांटे' (१९८०), 'उतरां आनी करण्यो' (१९८१), 'तियात्र माचयेर' (१९८२), 'इन्स्पेक्टर' (१९८७), 'आयचो समाज' (१९७८), 'काळोख आनी उजवाड' (१९८७), 'अंतस्करण आनी कायदो' (१९८७), 'भुरगीं आमची गिरेस्तकाय' (१९८७), 'झगझगता तितलें भांगर न्हय' (१९८८), 'आमी सगळे एक' (२००६), 'तियात्र' (नागरी) दोन तियात्र.

एकांकी : 'पुनरदिश्ट' (१९८१), 'एकअंकी नाटकुलीं' (१९८९), 'गीतां' (कातारां), 'थेंबे' (१९८४), 'मांडो' (लोकगीतां), (१९८६)

कथा : 'झेलो' (१९८५), निबंध : 'पळयलां तें बरयलां' (२००८)

कोंकणी (रोमी आनी नागरी) : कविता : 'पाकळ्यो' (१९८६), 'जीण' (१९९०), इंग्लीश निबंध : My journey (२००७), As I see it ! (२००८). Goykar ह्या रोमी नियतकालिकाचो तो संपादक आसा.

ताणे 'कला-मोगी' नावाची नाटक - संस्था सुरू करून, तिचेवरवीं, जायते तियात्र माचयेर हाडले आनी, कला अकादमिच्या वर्सुकी तियात्र महोत्सवांत साबार इनामां जोडल्यां. तेचपरी ताणे घडयल्ले 'कांदोळेचीं किरणां' हे संस्थेवरवीं गोंयांत तशें गोंयाभायर, 'मांडो' ह्या लोकनाचाचे जायते प्रयोग सादर केल्यात.

ताणें कांदोळी ग्रामपंचायतिचो सरपंच म्हणून सलग वीस वर्सां काम केलां. १९९४ त तो गोंयचे विधानसभेर वेंचून आयलो आनी, १९९५ त ताची विधानसभेचो सभापती म्हणून निवड जाली. सभापतीपदार आसतांना ताणें कॉमन वॅल्थ पार्लमेंटरी कन्फरन्सांनी (लंडन, श्रीलंका, मलेशिया आनी मोरीशस) वांटो घेतलो.

कोंकणी भाशीक चळवळींत ताचें सक्रीय योगदान घडलां. सद्याक तो 'तियात्र अकादमी - गोंय' चो अध्यक्ष आसा. ते भायर ताणें कला अकादमी-गोवा, दाल्गाद अकादमी, गोवा कोंकणी अकादमी अशा संस्थांनीं काम केलां.

ताका गोंय सरकाराचो 'सरपंच पुरस्कार' (१९९३), 'शिक्षक पुरस्कार' (२००३), 'साहित्य पुरस्कार' (२००९) फाव जाला. तशेंच कला - 'अकादमी साहित्य पुरस्कार', 'फा. आंतोन पिरेर पुरस्कार', 'वावराड्यांच्यो इश्ट पुरस्कार' फाव जाल्यात.

- सं. मं.

कार्दोज, फेलीस्यु शाव्हियेर इश्पेर्दियांव कायतान द रोझ : (जल्म : ३० ऑगस्ट १९३२, सुरावली - सालसेत मरण) गोंयचो सुटके झुजारी, साहित्यीक आनी पत्रकार. बापायचें नांव इनोसेंस्यु सेबाश्तियांव कार्दोज आनी आवयचें नांव मारीय ईद द पियेदाद मेर्गुल्यांव. ताच्या घराब्याचो वेवसाय शेतकामत्याचो आसलो.

ताणें आपलें मुळावें शिक्षण सुरावले गांवच्या पोर्तुगेज माध्यमांतले शाळेंत घेतलें. उपरांत मडगांवच्या इन्स्तितूतु वेनेरावेल पाद्री जुजे वाझ ह्या पोर्तुगेज लिसेंव विद्यालयांत शिकून फुडें इन्स्तितूतु आबादि फारीय, मडगांव ह्या विद्यालयांत लिसेवाचीं पांच वर्सांमेरेन शिक्षण पुराय केलें. उपरांत गोंयचे सुटके झुजांत बंदखण भोगून भायर येतकच १९७६ वर्सा तो एस्. एस्. सी. ची परिक्षा पास जालो. १९८० वर्सा ताणें मुंबय विद्यापिठाची बी. ए. पदवी मेळयली.

पोर्तुगेजांचे बंदखणिंतल्यान सुटतकच ताणें एका दाबिराच्या (ताबेलियांवाच्या) कार्यालयांत अणकारपी म्हूण काम केलें. मागीर एके खाजगी मुळावे मराठी शाळेंत तशेंच श्री. दामोदर विद्याभुवनांत १९६१ मेरेन पोर्तुगेज विशयाचे शिक्षण दिलें.

मुक्तीउपरांत स्वता चलयिल्ल्या सप्तकी नेमळ्याचो आनी दिसाळ्याचो संपादक म्हूण ताणें वावर केला. फुडें कांय काळ ताणें स्वता छापखानो चलयलो. १९७५ वर्सा सावन तो नावेलिच्या रोझरी हायस्कुलांत शिक्षक जालो. उपरांत तेच शिक्षण संस्थेंत १९८८ वर्सासावन हायर सेकंडरिचो शिक्षक आशिल्लो. एस्. एस्. सी. बोर्डाच्या 'बोर्ड ऑफ स्टडीज इन कोंकणी' हांचो तो वांगडी आशिल्लो.

लिसेव शिकतासतना जनार्दन शिंक्रे हाचें 'ज्वाला'

हें सुटके मोग्यांचो प्रसार करपी पत्र वाचून ताका स्फूर्त मेळ्ळी. ताणें जादुचे प्रयोग आनी तियात्र सादर करून तशेंच 'गोवा', 'कोंकण टायम्स', 'गोल्डन गोवा,' 'संतोस' आदी कोंकणी नेमाळ्यांनी लेख बरोवन सुटके चळवळीविशीं लोकांमदीं जागृताय घडोवन हाडली. मे १९५४ त, पोर्तुगालासांवन एक पोर्तुगेज मंत्री गोंयचे भेटेर येवपाचो आशिल्लो.

अशा वेळार कोलवें (साश्ट) हांगा वेगवेगळ्या सुवातींनी 'गोंय सोडात' अशे तकटे लावपांत ताणें वांटो घेतिल्लो. देखून १६ जून १९५४ दिसा ताका अटक केली. बंदखणींत ताका खूब मार पडिल्ल्यान ताचो एक कान जायबंदी जालो. मडगांव आनी आग्वाद हांगा साडेतीन वर्सांनी बंदखण भोगून ३० जानेवारी १९५८ दिसा ताची सुटका जाली. बंदखणींत आसतना ताणें देवनागरी लिपिचो अभ्यास आनी साहित्याचें वाचन केल्लें.

मुक्तीउपरांत कोंकणी भाशा आनी साहित्य हाचे उदरगतिचे चळवळीक ताणें स्वता नेमाळीं आनी दिसाळें काडून व्हड हातभार लायला. ताणें १५ ऑगस्ट १९६२ दिसा 'गोंयचो साद' हें रोमी लिपिंतलें सप्तकी नेमाळें स्वताच्याच म्हालवजार आनी संपादनाखाला सुरू केलें. १५-८-१९६३ दिसा ताणें ह्या पत्राक दिसाळ्याचें रुप दिलें आनी ताका 'सत' हें नांव दिलें. कोंकणींतलें हें पयलें दिसाळें १५-८-१९६८ मेरेन चल्लें. उपरांत ताणें पोर्तुगेज भाशेंतलें 'अ वीद' आनी 'सत' हाचें एकत्रिकरण करून 'दिवटी' हें रोमी कोंकणी दिसाळें सुरू केलें. ह्या दिसाळ्याचो तो मुखेल संपादक नासलो तरी संपादनाची सगळी जापसालदारकी ताच्या आंगार आसली. उपरांत ताणें 'दिवटी' हें दिसाळें सोडून 'लोकसाद' हें कोंकणी सप्तकी नेमाळें सुरू केलें. पूण एकूच वर्स तें चल्लें. वेगवेगळीं रोमी कोंकणी नेमाळीं चलयतना, ताणें कोंकणी बरपाचेर जो पोर्तुगेज भाशेचो प्रभाव पडिल्लो तो साप उणो केलो आनी नीज कोंकणीची घाटणी आनी उतरावळ कोंकणींत हाडली.

गोंयचें स्वतंत्र व्यक्तिमत्व तिगोवन दवरपाचे चळवळींत, तशेंच कोंकणी भाशा आनी साहित्याचे चळवळींत ताणें मोलादीक वांटो घेतिल्लो. खबरेपत्रां आनी भाशणांवरवीं ताणें ओपिनियन पोलाच्या आंदोलनांत वांटो घेतलो. 'कोंकणी प्रजेच्या आवाजा'न चलयिल्ले राज्यभाशा चळवळिंतूय ताणें सक्रीय वांटो घेतिल्लो. दोन फावट तो सुरावली पंचायतिचो वांगडी म्हूण वेंचून आयला.

ताणें 'अलिबाबा आनी चाळीस चोर', 'तारवटी सिंदबाद', 'अलाउद्दीन आनी अद्भूत दिवो' हीं पुस्तकां कोंकणींत अणकारल्यात. 'तुफान आनी निमणी इत्सा' हे कथांझेले आनी 'फुलांची बाग' हो कविता झेलो उजवाडाक आयला. ताणें 'कोंकणी भाशेवयर नियाळ आनी विचार' हो निबंध बरयला. तशेंच ताच्यो कथा, लेख आनी निबंध वेगवेगळ्या नेमाळ्यांनी उजवाडाक आयल्यात आनी रेडिओवयल्यान ध्वनीक्षेपीत जाल्यात. ताणे कांय तियात्रय बरयल्यात १९८४ ते १९८६ मेरेन तो कोंकणी भाशा मंडळाचो अध्यक्ष आशिल्लो. भारत सरकारान ताका ताम्रपत्र दिवन सुटके झुजांतल्या ताच्या वावराचो भोवमान केला. पत्रकार ह्या नात्यान ताणें १९६९ वर्सा आनी रशियन भाशेचो अभ्यास करपाखातीर १९७७ वर्सा रशियाची भोंवडी केल्या.

– सं. मं.

कार्नाड, गिरीश: (जल्म : १९ मे १९३८) नामनेचो नाटककार, नट, दिग्दर्शक आनी साहित्यीक. कन्नड नाटक आनी कन्नड तशें हिंदी चिपत्रपटांत व्हड ख्याती जोडिल्लो कोंकणी मनीस. ताचो बापूय रघुनाथ हो वैज आसलो. ताचें आवयचें नांव कृष्णाबाय, ताचे घरकान्नीचें नांव डॉ. सरस्वती गणपती. ताच्या घरांत मुक्त विचाराचें कुटुंबीक वातावरण आसलें. शिरसी गांवांत प्राथमीक आनी माध्यमीक शिक्षण घेतले उप्रांत, गणीतशास्त्र आनी संख्याशास्त्र विशय घेवन ताणें धारवाडा कर्नाटक विश्वविद्यालयांतल्यान १९५८ वर्सा पदवी घेतल्या उप्रांत, पदव्युत्तर युनिव्हर्सिटींत एम्. ए. चो अभ्यास करताना रोडस विद्यार्थीवेतन घेवन तो इंग्लंडाक ऑक्सफर्ड युनिव्हर्सिटींत गेलो. ऑक्सफर्ड युनिव्हर्सिटीची तत्त्वशास्त्र, राज्यशास्त्र आनी अर्थशास्त्र ह्या विशयांतली एम्. ए. ची पदवी ताणें १९६३ त घेतली. थंय कांय काळ तो विद्यार्थी युनियनाचो अध्यक्षय जाल्लो. भारतांत येतकच, मद्रासांतल्या ऑक्सफर्ड युनिवर्सिटी प्रेसांत उपवेवस्थापक म्हणून १९६३ ते ७० च्या काळांत काम केलें. उप्रांत कांय काळ थंयच वेवस्थापक म्हणूनूय काम केलें.

१९७४ – ७५ च्या काळांत पुणेच्या फिल्म आनी टेलीविजन इन्स्टिट्युटचो संचालक, १९८७–८८ च्या काळांत शिकागो विश्वविद्यालयाचो संदर्शक प्राध्यापक आनी फुल ब्रैट स्कॉलरशीप जोडपाचो मान फाव जालो. १९८८–९३ काळांत केंद्रीय संगीत नाटक अकादमीचो तो अध्यक्ष आसलो. लंडनच्या नेहरू सेंटरांतल्या संचालक पदाच्या काळांत ताणें भारत आनी इंग्लंड हांचेमदीं सांस्कृतीक संबंध घडोवन हाडूंक खूप बरें काम केलां.

ताणें आपल्या नाटकांनी इतिहास आनी लोकवेद हांचें नव्या संदर्भांत दर्शन केलां. ह्या ताच्या तंत्रान कन्नड नाटकाक एक नवी दिका दिली. पुराण कथेचेर आदारीत ताचें पयलें नाटक 'ययाती' खुपूच गाजलें. मराठी आनी हिंदी धरून जायत्या भासांनी ताचें रुपांतर जावन थंय ताचें प्रयोग जाले. पुराणकथा विशयक ताणें आनीक बरयल्लीं नाटकां 'मानिषाद', 'हिट्टिनहुंज' आनी 'अग्नी मत्तु' आसात. उप्रांत ताणें इतिहासाचेर आदारीत तुघलक, तलेदंड आनीं टिप्पु सुलतान, कंड कमसुगळु हीं नाटकां बरोवन समर्थपणान सादर केलीं. इतिहासीक म्हान व्यक्तिसंबंधीं जो एक म्हानतायेचो समज प्रचलीत आसलो, ताका छेद दिवन ह्या व्यक्तिचें एक मनीस म्हणून वैयक्तीक जिवन दर्शन मांडटाना ताचें सामाजीक, मानसीक भावदर्शन ताणें पयलेच फावट नाटकांतल्यान घडयलें. लोकवेदाचेर आदारीत 'हयवदन' आनी 'नागमंडळ' अशीं दोन नाटकां ताणें बरयलीं.

लोकवेदांतलें समाज मन आनी आधुनीक जिवन–शैली हांच्या परस्पर भाव–बंधनावयलें 'हयवदन' हें नाटक देशांत तशे देशाभायर बरेंच गाजलें. परदेशांत शिकूंक गेल्ल्या भाव–भयणीमदीं निर्माण जावपी लैंगीक आकर्शणाचेर बरयल्लें ताचें ''अंजुमल्लिगे'' हें एकमेव सामाजीक नाटक आसा.

वळखिच्याच विशयांक आधुनीक जिवन–शैलीचो अविश्कार, तो मांडपाक वापरिल्लें एक आगळें अशें नाट्यतंत्र, ताका लागपी सकस अशी वातावरण निर्मिती आनी ताका जोड दिवपी अर्थपूर्ण अशे संवाद हें गिरीशान कन्नड नाटकाक दिल्लें नवें मोडण. हाका लागून कन्नड नाटकाकच न्हय, तर ह्या कन्नड नाटकांवरवीं भारतीय नाटकांक एक आगळो आयाम प्राप्त जालो. ताणें बरयल्लीं 'ययाती', 'तुघलक', 'हयवदन' सारख्या नाटकांचे

अणकार जायत्या भारतीय तशें परकी भाशांनी जावन त्या त्या भाशीक माचयेरय ताचें प्रयोग यशस्वी जाले. ह्या नाटकांनी एक समर्थ नाटककार म्हणून गिरीशाक नामनां जोडून दिली. तशेंच राज्य आनी राश्ट्रीय पांवड्याचेर ताका पुरस्कार प्राप्त जाले.

गिरीशालें दुसरें कार्यक्षेत्र चित्रपट आसा. नाटकां सारखेंच ताचें ह्या मळावयलें योगदानय तितकेंच म्हत्त्वाचें थारलें. नट आनी दिग्दर्शक म्हणून ह्या मळार ताणें आपणाखातीर खाशेली सुवात निर्माण केली. प्रा. यू. आर. अनंतमुर्ती हाणें बरयल्लें 'संस्कार' कादंबरिवयल्यान ताणें त्याच नांवाचो कलात्मक कन्नड चित्रपट काडलो. ह्या चित्रपटाची पटकथा, संवाद, दिग्दर्शन आनी प्रणेशाचार्य ही मुखेल भुमिका करून ह्या चित्रपटाक नामनां जोडून हाडली. ह्या चित्रपटाक १९७१ तलो श्रेश्ट चित्रपट म्हणून राश्ट्रपती भांगरापदक फाव जालें. एस्. एल्. भैरप्पा हाचें 'वंशवृक्ष' कादंबरिचेर आदारीत ताचें नांवान आयिल्ल्या चित्रपटाचें बी. व्ही. कारंत हाच्या वांगडा सहदिग्दर्शन करून ताणें राज्य आनी फिल्मफेअर पुरस्कार मेळयलो. आलनहळ्ळी श्रीकृष्ण, हाचें एके कादंबरिचो आदार घेवन ताणें 'काडु' हो आनीक एक चित्रपट स्वतंत्रपणान तयार केलो. 'ओंदानोंदु कालदल्लि' आनी 'संत शिशुनाळ' शरीफ हें ताणें स्वतंत्रपणान दिग्दर्शीत केल्ले आनीक दोन सिनेमा आसात. संस्कृत नाटककार शूद्रक हाचें 'मृच्छकटिक' नाटकाचेर आदारीत 'उत्सव' ह्या हिंदी सिनेमाचें ताणें दिग्दर्शन केलें. 'चेलुवी' ह्या ताच्या आनीक एका हिंदी सिनेमा राश्ट्रपती पुरस्कार फाव जाला. कन्नड, इंग्लीश, हिंदी चित्रपट आनी टी. वी. चित्रमाळांनी ताच्या उच्च पांवड्याच्या अभिनयाक लागून एक बरो नट म्हणून ताका नामना मेळल्या. नामनेचो विज्ञानीक यशपाल दिग्दर्शीत विज्ञान आनी तंत्रगिन्यान प्रगतिचेर आदारिल्ले दूरदर्शन धारावाहींत निरुपकाचे भुमिकेंतल्यान ताणें केल्ल्या कामाखातीर ही चित्रमाळ लोकप्रीय जावंक पावली.

साहित्य, रंगमाची आनी चित्रपट अशा माध्यमांतल्यान आपल्या आंगांतले कलेचो अविश्कार घडयल्ल्या गिरीशाक जायत्या संस्थांकडल्यान सन्मान प्राप्त जाल्यात. 'भारतीय ज्ञानपीठ' (१९९९) 'भारत सरकाराचे पद्मभुषण' (१९९२), 'पद्मश्री' (१९७४), 'कालिदास सन्मान' (१९९८), 'केंद्र साहित्य अकादमी' (१९९४), 'केंद्र संगीत नाटक अकादमी' (१९७२), 'कर्नाटक राज्योत्सव' (१९७०), 'कर्नाटक साहित्य अकादमी' (१९९४), 'कर्नाटक नाटक अकादमी' (१९८४) कर्नाटक विश्वविद्यालयाची मानद डॉक्टरेट.

संस्कृताय, साहित्य, नाटक, चित्रपट संबंधीत जायत्या देशी-विदेशी कार्यावळिंनी ताणें वांटो घेतला आनी भारताचें प्रतिनिधित्व केलां. गोंय विद्यापिठात निर्माण केल्ल्या पयल्या कोंकणी विश्वकोशाच्या दुसऱ्या खंडाचें प्रकाशन ताच्या हस्तुकीं जालां.

– डॉ. जयवंत नायक

367

कार्नाड, सदाशिव राव : (जल्म : ९ जानेवारी १८८१ – मंगळूर – कर्नाटक – मरण : १९३७ मुंबय)

एक स्वातंत्र्यसैनीक आनी समाज सुधारक. रामचंद्र राव आनी राधाबाय ह्या दांपत्यालो सदाशिव हो एकलोच पूत. मद्रासच्या प्रेसिडेन्सी कॉलेजांतल्यान पदवी – परिक्षा पास जावन मुंबय वचून कायद्याची (एल्. एल्. बी.) पदवी घेतली आनी मंगळुराक वकिली सुरू केली. पूण देशांत स्वातंत्र्याची चळवळ सुरू जायनाफुडें सदाशिवान वकिलिचो वेवसाय सोडून सार्वजनीक मळार काम करूंक सुरवात केली.

घरची गिरेस्तकाय आशिल्ल्या सदाशिवाक आशी कुशिन्च्या दुर्बळ लोकांची चिंता दिसताली. तांची दैना पयस करपाची ताका तळमळ लागिल्ली. तशेंच जाती भेद, लींग भेद, दुर्बळांचें शोशण, बायलमनशेची असहायता हांचो ताका हुस्को जातालो. दुर्बळ लोकांखातीर काम करपाच्या उद्देशान ताणें समाज सुधारणेचें काम हातांत घेतलें. वांगडा, गांधीजींच्या स्वातंत्र्य चळवळींतय तो सक्रीय जालो.

महात्मा गांधीजींच्या विचारांच्या प्रभावाखाला आयिल्ल्यान, ताणें 'मिशन फॉर डिप्रेस्ड क्लास' हे संस्थेचो वांगडी जावन हरिजनोद्धाराचें कार्य सुरू केलें. ताणें आपल्याच घरांत 'तिलक विद्यालय' नांवाची शाळा सुरू करून, सगळ्या जाती–धर्मांच्या विद्यार्थ्यांक प्रवेश दिलो.

हांगा सूत कांतप, विणप, हेर हस्तकला शिकप आनी हिंदी भाशेचें शिक्षण दिवपी अशें राश्ट्रीय वृत्तिचें कार्य चलतालें. सदाशिव रावाले शाळेचो आदर्श मुखार दवरून फुडें कर्नाटकांतल्या दक्षीण कन्नड जिल्ल्यांत अशो अठरा शाळा सुरू जाल्यो. दक्षीण कन्नड जिल्ल्यांत हरिजन लोकांक देवळांत प्रवेश करून दिवपाखातीर ताणें केल्ले चळवळीक यश येवन थंय हरिजनांक मंदीर प्रवेश मेळलो. हांगच्या कांय देवळांत पशुबळी दिवपाची पद्दत आसली. तिचें आड लोकमत तयार करून ताणें ही प्रथा बंद केली. सदाशिव रावान आपणाले घरकान्निच्या आदारान 'महिला सभा' सुरू करून ताणें दोगांनीय विधवा आनी दुर्बळ बायलांक स्वताच्या पांयार उबीं रावून स्वावलंबी जावपाक उपकारा पडपी दाई, शिक्षिका, जावपाचें प्रशिक्षण दिवपाची वेवस्था केली. तशेंच शिलाय कामाचें शिकप दिवन तांकां स्वताची जोड जोडपाक मजत केली. ताणें बालविधवांचें पुर्नलग्न करपाची चळवळ करून तिचेवरवीं तांचे विवाह जुळोवन हाडले.

स्वातंत्र्यपूर्व काळांत देशकार्याचो तेदेवळच्या काँग्रेस पक्षाचो संदेश कर्नाटकांतल्या गांवांगांवांत पावोवपाचें कार्य सदाशिव रावान केले. 'कर निकारण' आनी 'मिठा – सत्याग्रह' अशा राश्ट्रीय चळवळींत तो सक्रीय आसलो. ताचे राजकीय कार्यावळिखातीर ताका तीन फावट बंदखण भोगची पडली.

१९२३ च्या सुमाराक घरकान्न शांताबाय, एक

धूव आनी एकसुरो पूत देवाधीन जालेउप्रांत तो महात्मा गांधीच्या साबरमती आश्रमांत रावन कॉंग्रेस पक्षाचेवतीन देशसेवा करुंक लागलो. पक्षाच्या कामानिमित्त मुंबय आयिल्लेकडेन ताका १९३७ त मरण आयलें.

– डॉ. गिता शेणै

कार्निवाल (इंग्रज) : मूळ योरोवपी, पूण सद्याक गोंयान आपणायिल्लो किरिस्तांव समाजाचो एक उत्सव. कार्निवाल, कार्नावाल, कार्नोवाल हीं कार्निवाल दबाज्याचीं वेगवेगळीं नांवां आसलीं तरी 'कार्निवाल' हेंच नांव चड घोळटा. लॅटीन भाशेंत ताचो अर्थ कार्निवाल उपरांत मांसाहार सोडप, असो जाता. म्हळ्यारच किरिस्तांवांचो ४० दिसांचो उपास–काळ 'लेंट' येवचे पयलीं मजा करप. उपासाचो म्हयनो येवचे पयलीं खोस परगटावप आनी मनिसपणाचें लक्षण दाखोवपाची थोड्या भोव प्रमाणांत तयारी करप. उपासाचो म्हयनो येवचे पयलीं मांस, लोणी, चीज, दूद, तांतीं, चरबी, बेकन ह्यो वस्तू घरांत हाडप, बंद करप. तेखातीर 'ॲश वेनस्डे' (लेंट मोसमाचो पयलो दीस) येवचे पयलींच घरांत सांठयल्लें उंची अन्न खातात. कार्निवालाच्या वेळार खोस मनोवन उंची अन्न आनी वस्ती लोकांक वांटून सोंपयतात.

कार्निवालाचें मूळ, १४ व्या शेंकड्याचे अशा उत्सवाचे परंपरेंत रिगिल्लें आसा. कार्निवालाचे उत्पत्तिविशिंचो निश्चीत इतिहासीक पुरावो मेळना. नव्या वर्साचे सुरवातीक आनी सृश्टिचे सोबायेन शिरंगारिल्ल्या सैमाक येवकार दिवपाखातीर मनोवपांत येवपी एका मूळ पुर्विल्ल्या सणा–परबेंतसून कार्निवालाचो जल्म जाला आसुंये, अशें कांय जाणकारांचे मत आसा.

कार्निवाल दबाज्याचो पयलो दीस राश्ट्रा–राश्ट्राप्रमाण थंयचे थळावे परंपरेक अनुसरून थारायल्लो आसता. म्युनीच (बॅव्हेरिया) हांगाचो कार्निवाल एपीफनीच्या फेस्तादिसासांवन म्हळ्यार ६ जानेवारी सांवन सुरू जाता. ११ नोव्हेंबराक सकाळच्या ११.११ वरांचेर (इकरावो म्हयनो, दीस, वर आनी मिनीट) सुरू जाता. अमेरिकेंत 'न्यू ऑर्लियन्स' शारांत कार्नीवालाची परब व्हडा दबाज्यान मनयतात. थंयचो कार्निवाल 'बारावे राती' (जानेवारी ४) सांवन सुरू जाता. आनी 'इरोव च्युसडे'च्या १० दीस पयलीं म्हळ्यार 'मार्दी ग्रा' मोसमामेरेन चलता.

फ्रेंच भाशेंतलो 'मार्दी ग्रा' ('इरोव – च्युसडे' वा 'फॅट च्युसडे') म्हळ्यार लेंट मोसम सुरू जावचे पयलीं मांस खावपाचो निमाणो दीस नातलां ते लेंट म्हणसर 'मार्दी ग्रा' काळ उरता. फ्रांसांत कार्निवालाचो उत्सव 'इरोव च्युसडे' सांवन 'मिकारेमी' मेरेन म्हळ्यार लेंट मोसमाच्या तिसऱ्या सप्तकांतल्या बिरेस्तारामेरेन मनयतात.

इटलींत कार्निवालाक 'कार्नावालारे' अशें म्हण्टात. तो शब्द इटालियन 'आवालारे' शब्दावेल्यान आयला. म्हळ्यार वर्साच्या त्या वेळार अती मांस भक्षण करप. ह्या फेस्ताक 'कार्नालिया' अशेंय 'सॅटर्नालिया' वयल्यान म्हणटात. 'सॅटर्नस' हो शेतांचो देव, जाचें फेस्त दर वर्सा डिसेंबराक जाता.

रोमन लोक कार्नीवालाचो उत्सव व्हडा दबाज्यान मनयतात. आदल्या काळांत रोमचो कार्नीवाल उत्सव सबंद संवसारांत नामनेक पाविल्लो. उपरांत कांय काळाखातीर सत्तेर आयिल्ल्या पोप आनी ताच्या वांगड्यांनी कांय बदल करून सामान्य मनशाखातीर



किंग मोमो

करमणुकिच्यो कार्यावळी घडोवन हाडल्यो. अशें म्हण्टात, की पुर्विल्ल्या काळांत रशियांतल्या जिल्ल्यांच्या वाठारांनी 'मासलियानिस्टा' (लोणयाची देवता - Butter Goddess) सोबितपणान शिंगारताले, कार्निवालाच्या दिसा देवतेक बर्फाचेर निसरून वचपी गाडयेर सगळ्याक भोंवडायताले, शेतकामती खाशेलीं गीतां गायताले, सप्तकाच्या निमण्या दिसा तिका लासताले आनी खोशयेचो इस्टर ये म्हणसर निरोप घेताले. कार्निवालाच्या माध्यमावरवीं पारंपारीक लोककला, लोकगितां आनी लोकनृत्यां हांची उदरगत जायत गेली.

गोंयचो कार्निवाल : पोर्तुगेज राजवटींत सुरू जाल्लो कार्निवाल गोंय सुटके उपरांतूय गोंयांत चालू उरलो. गोंयकार शिगम्या वांगडाच कार्निवाल दबाज्यान मनोवंक लागले. सुटके उपरांतच्या गोंयांत कार्निवाल म्हयनोभर मनयताले. त्या वेळार लोक एकामेकांगेर वचून फाटलें दुस्मानपण आसल्यार, तें विसरून खोस मनयताले. नाचाच्यो आनी गायनाच्यो सर्ती आसताल्यो. पोरन्या आनी नव्या वाद्यांच्या संगिताच्या तालार लोक उर्बेन आनी उमेदीन कार्निवाल मनयताले. तरेकवार रंगानी भरिल्ल्यो 'कोकाती' (रंगाचो पिठो भरिल्ल्यो कागदाच्यो पुडयो) लोक एकामेकांचेर आनंदान मारताले. बाजारांत त्या वेळार मेळपी चॉकलेटी, पेपरमिंटांचोय जाण्ट्या - नेण्यांचेर शिंवर जातालो.

आदल्या काळांतल्या कार्निवालाचें 'खेळ' हें

गांवांखातीर खाशलें आकर्शण आसलें. हे खेळ म्हणजे गांवांगांवांनी जावपी कोंकणी रस्त्यानाट्य (Street plays) आसताले. गांवच्या फेस्तावेळार बंदिस्त माचयेर जावपी तियात्र (Konkani plays) आनी 'खेळ' हाचें मदलो फरक म्हणजे खेळ हे गांवांतले मध्यवर्ती उक्ते सुवातेर आनी पड्ड्यांबगर म्हणजे नेपथ्याबगर आनी आवाज येवजणे बगर जाताले. तियात्रांसारखींच नाटकां पूण ल्हान आकाराचीं आनी चडशीं उत्स्फूर्त भाशणां आनी पदांचीं (कांतारां) आसतालीं. तियात्राक लागता तशें खेळांकय पश्चिमी धर्तीचें संगीत हें तांचे खोशलें आंग आसतालें. गांवचे कलाकार (अभिनय आनी संगीत) एक खेळ-पंगड करून गांवांगांवांनी कार्निवालाच्या दिसांनी खेळ सादर करताले. ह्या नाटकांनी गांवच्या प्रेक्षकांचें मनोरंजन आसतालेंच, आनी तेच वांगडा खेळांतल्या कथानकांवरवीं समाजीक, नैतीक, धार्मीक शिकवण दिवप जातालें. आदल्या काळांत आतांसारखीं मनोरंजनाचीं साधनां उपलब्ध नाशिल्ल्यान ह्या खेळांक गांवांत उपाट गर्दी जाताली. आदल्या काळांत कलाकारांक बिदागी (Payment) आसनासली, पूण हेर खर्चाक फावसारखी देणगी गांवचे लोक वर्गणी काडून दिताले. हालिंसरां पर्थून अशे खेळ करपाक सुरू जालां. पूण तातूंत आधुनिकता चड येता. आधुनीक आवाज येवजण (Sound System), संगीत वाद्यां (Key board), नेपथ्य (Stage) हांचो वापर जावंक लागला. तेभायर आतां हे खेळ करपी कलाकार (अभिनय आनी संगीत तशे हेर) खेळाप्रमाण आपली बिदागी थारावन घेता. अशी बिदागी दिवन आनी हेर खर्च करून अशे खेळ सादर करपी प्रायोजक, चडशे राजकारणासंबंधीत लोक मुखार सरल्या. देखून, आतां अशा खेळांचें आदलें ग्रामीण कलेचें आंग वचून, थंय आतां वेवसायीक रुप येवक लागलां.



रस्तो नाच

१९६७ सांवन गोंयांत, सरकारी थरार पर्यटन खात्यान कार्निवाल मनोवपाक सुरूवात केली. गोंयचो कार्निवाल फेब्रुवारी म्हयन्यांत येता. त्या वेळार पणजे पालिका बागेंत पयलीं कींग मोमोची मिरवणूक येता. 'कींग मोमो' फोगेट्यांच्या आवाजांत पणजे शारांत प्रवेश करून आपल्या ३ दिसांच्या राज्याचो (कार्यावळिचो) जाहीर नामो वाचता. ह्या

जाहीर नाम्यांत 'खायात, पियात, मजा करात,' असो तीन दिसांखातीर संदेश आसता. ह्या तीन दिसांत वेगवेगळ्यो संस्कृतीक कार्यावळी 'नाच' आनी 'फॅन्सी ड्रेस' सर्ती रस्त्याचेर जातात. पणजी शारांत कींग मोमोच्या मुखेलपणाखाला रस्त्याचेर वेगवेगळे विशय (पर्यावरण, पर्यटन, शिक्षण, राजकारण आदी) नदरेमुखार दवरून भोंवते देखावे गाड्यांचेर बसोवन वाजत-गाजयत आनी नाचत - नाचत व्हड मिरवणूक काडटा. हातूंत उद्योग-आस्थापनां, सामाजीक - सांस्कृतीक - शिक्षणीक संस्थां, सरकारी आस्थापनां वांटो घेता. हे भोंवते देखावे आनी रस्त्यावयल्यो सांस्कृतीक कार्यावळी पळोवपाक देशी-विदेशी भोंवडेकार मुद्दाम ह्या दिसांनी गोंयांत येता. अशेच तरेचे देखावे आनी सांस्कृतीक कार्यावळी गोंयच्या सगळ्या मुखेल शारांनी एका फाटोफाट जाता. रस्त्यांवयल्या अशा कार्निवाल कार्यावळिचें गोंय सरकाराच्या पर्यटन खात्यावरवीं आयोजन जाता.

कार्निवाल हो मुळांत अस्तंतेकडलो दबाजो आशिल्ल्यान आनी त्या वेळार रस्त्यार जावपी नाचांनी भारतीय संस्कृतायेक सोबना अशी चल्या - चलयांची आंगमोडणी आनी भेस हांकां हरकत घेवपी लोकमत तयार जाल्ल्यान सरकारी पातळेवेल्यान जावपी कार्निवाल १९८६ वर्सा सांवन बंद जालो, पूण उप्रांत पर्यटनाची गरज आनी लोकांची मागणी पळोवन पर्थून कार्निवल सरकारी पातळेवेल्यान सुरू जाला.

कार्निवालाक कांयकडेन 'इंत्रूज' अशेंय म्हणटात. हें उतर पुर्तुगीज Intrudo ह्या उतरावयल्यान आयलां.

किर्निवालावेळार सवंगां नाचतात त्या कार्यावळीक 'इंत्रूज' अशें म्हणटात. कार्निवाल हो मुखेल दबाजो धरलो तर इंत्रूज हो ताचो एक वांटो अशें मानूं येता. कार्निवालाक धरून आशिल्लो इंत्रूज हो किरिस्तावांचो उत्सव आसलो, तरी कांय इतिहासीक कारणांक लागून गोंयच्या एका गांवांत हिंदू समाजय तो आपलो धार्मीक उत्सव म्हणून मनयता. व्हडल्या गोंयांसांवन णव किलोमिटर अंतराचेर आशिल्ल्या डोंगरी ह्या गांवांत हिंदू लोक इंत्रूज म्हणजे शिगमो कसो मनयता. कार्निवाल आनी इंत्रूज ह्यो दोनय परबो गोंयांत वांगडाच मनयतात. डोंगरेवयलो इंत्रूज हो गोंयांतलो पयलो शिगमो आसता.

हिंदुंचे हे शिगम्याचे परबेक इंत्रूज हें नांव कशें पडलें ते संबंधी एक दंतकथा जाण्टेले सांगतात. पुर्तुगिजांच्या काळांत गोंयकारांच्या धार्मीक कार्यावळिंचेर सरकाराची जायती बंधनां आसतलीं. तेखातीर भौशीक तरेच्यो परबो करपाक सरकाराची मान्यताय घेवची लागताली आनी ती मेळोवपाक जायत्या कटकटींक तोंड दिवचें पडटालें. जेन्ना शिगमो मनोवपाक म्हणून डोंगरेवयले लोक सरकाराकडेन गेले, तेन्ना हिंदुच्या शिगम्याक पर्तुगीज सरकाराचीं आडमेळीं येतलीं हें खबर जाल्ल्यान, तांणी शिगम्या जाग्यार इंत्रुजाचें नांव घेवन तो मनोवपाखातीर मान्यताय मागली आनी तांकां ती मेळ्ळीय. तेन्नाच्यान डोंगरेवयल्या शिगम्याक 'इंत्रूज' हें नांव पडलें.

माघ म्हयन्याच्या कृष्ण पक्षांतल्या पयल्या शुक्राराक डोंगरेर इंत्रुजाक सुरवात जाता. पयले दीस, 'फट्यां-सुवारी'. ह्या दिसा गांवचे सुंवारी - कलाकार घुमटां, शामेळ, कासाळीं सारकीं वाद्या घेवन माटवांत सुंवारी वाजयता. आदल्या तेंपार ह्या दिसा खूप थंडी पडटाली. म्हणून लोक 'फटीं' म्हणजे 'कांबळी' पांगरून माटवांत येवन सुंवारी वाजयताले ती सुंवारी म्हणून 'फट्यां - सुंवारी' जाली.

इंत्रुजाच्या दुसरे दिसा, म्हणजे शेनवारा इंत्रुजाचे विधीक सुरवात जाता. हांगच्या पांच माटवांतले लोक आपापल्या माटवांत एकठांय येतात. गुडयो, तोरणां, अब्दागीर सजोवन दवरता. दिवटी घेवंन कुळावीं तयार रावतात. वंशपरंपरेन शेनाय आनी शींग वाजोवपी हीं वाद्यां वाजयतात. गांवचे जाण्टेले, थळावीं दैवतां शांतादुर्गा, सांखळ्यो, रवळनाथ आनी पांच पंचिशटांक गाराणें घालतात. सत्रेच्या देवाक सत्रेर वचून बसपाक आवाहन करता. उपरांत दिव्यांच्या उजवाडांत शेमेळ, घुमटां, कासाळ्यांच्या वाजपाचे साथीन सत्र्यो फुलयता. उपरांत हो पुराय मेळ गांवांतल्यान भोंवत-भोंवत, वाजत-गाजत इंत्रुजाच्या माटवांत येता. हातूंत व्हडल्या भाटांतल्यो तीन आनी धाकट्या भाटांतल्यो दोन मेळून पांच सुंवारी आसता. थंय मागीर पिंपळापेडामुखार पांचय सुवारिंचें वाजप चलता. ह्या सत्र्यो फुलोवपाच्या कार्यावळीक गांवचे तशे गांवांभायर रावपी डोंगरेवयले लोक वर्सुकी परब समजून मुद्दाम हजेरी लायतात.

तिसऱ्या दिसा, म्हणजे आयताराक सुंवाऱ्यो दर एका घरामुखार वता. थंय घराच्या हुंबऱ्यांचेर सुंवारी - वाद्याची पुजा घरचे लोक करतात. सुंवारी पर्थून माटवांत पावतकीर मागीर नाटकाक सुरवात जाता. व्हडलेंभाट आनी धाकटें भाट अशे दोनय कडेन नाटकाचे प्रयोग जाता.

सोमारा सांजची देवीची सजयल्ली लालखी, बँडाच्या वाजपावांगडा गांवांतल्यान भोंवडायता. गांवांतल्यो सवायशिणी बायलो तेवेळार देवीची होंट भरता. लालखी माटवांत पावतकीर नाटकाक सुरवात जाता. मंगळारा दिसा पांचय माटवांतले लोक एकठांय येवंन मेळ करता. ह्या दिसा सुंवारी वाजयनात, जाल्यार धोल, ताशे असलीं वाद्यां वाजोवन मेळ गांवभर मिरवणुकीन वता. निमण्या दिसा, म्हणजे बुधवारा गुलाल जाता. सगळे जाण माटवांत जमतात आनी परब बरेभशेन जाली म्हण देवाचे उपकार मानपी गराणें घालता. सत्रेवयल्या देवांक पर्थून आपापल्या जाग्यार बसपाक विनयतात. बिरेस्ताराक सत्यनारायणाची म्हापुजा करून इंत्रुजाची सांगत करतात.

डोंगरेर हिंदू लोक इंत्रूज मनयतात आनी केपें तालुक्यांतल्या गांवांत इंत्रूज मनोवपी किरिस्तांव लोक गांवच्या हिंदू लोकांच्या घरामुखार खेळ करतात. गोंयचे किरिस्तांव हे आदले हिंदूच आशिल्ल्यान तांचें धर्मांतर जावचें पयलीं हिंदुमदीं शिगम्याची परब मनयताना शिगम्याचो मेळ हिंदुंच्या घरामुखार खेळटालो. तीच परंपरा धर्मांतर जावन किरिस्तांव समाजाकडसून चलता आसूं येता.

– सं. मं.

कार्बो : पळयात कारवो

कार उत्सव : कर्नाटकांतलो एक रथोत्सव. ह्या उत्सवांत देवाक चक्रांच्या रथांत बसोवन ताची मिरवणूक काडटात. चक्रांचेर चलपी ह्या रथाक कार रथोत्सव वा निखटो कार उत्सव म्हणटात. देव ज्या रथांत बसता, ताकां चक्रां आशिल्ल्यान तें चक्राचें वाहन समजून ताका कार उत्सव असें अर्दें इंग्लीश उतर आनी अर्दें कोंकणी उतर घडलां असूं येता. खरेपणी तो हेर कोंकणी प्रदेशांत आसता तसोच तर (तेरू) आसता.



कार उत्सव – मंगळूर

कार – उत्सवांतलो रथ हो भोवमजली तेर (केर) वाहनासारखो आसता. एका मजल्यार देवाची मूर्त बसयता. रथाच्या माथ्यार गुडयांचें मालें आसता. भावीक लोक हो रथ देवळासभोवतणीच्या रस्त्यावयल्यान ओडीत व्हरता. मंगळुरच्या व्यंकट-रमण देवाचो हो रथ ज्या रस्त्यावयल्यान वता त्या रस्त्याक कार रस्तो (Car street) अशें नांव पडलां. कर्नाटकांत कोंकणी लोकांच्या देवळांनी, विशेश करून व्यंकटरमण मंगळुर, व्यंकट-रमण (बंटवाळ), श्रीनिवास (कारकल), आनी लक्ष्मीनरशींव (मुलकी) हांगचे कार उत्सव लोकप्रिय आसात.

गोंयांत अशा चक्रांचेर चलपी रथांक 'तेर' वा 'केर' म्हणटात. कर्नाटकांतलें कार हें उतर 'केर' ह्या उतराक लागीं लागता. पूण चक्रांचेर (Wheels) चलपी वाहन ते कार (car) ह्या अर्थान थंय कार-उत्सव म्हणप जाता.

कार हें इंग्लीश उतर हलिचें म्हणटकीर कार-उत्सव हा उत्सवाक तें हालींच दिलां आसूं येता. पूण कार – उत्सवांत जो तेर वा तेरू (रथ) आसाता तो खूप आदिंचो. आदींच्या उत्सवाक केर वा तेर (तेरू) म्हणटाले आसूंये. ह्यां आदल्या उतरांचो अपभ्रंश जावंन वा इंग्लीश उतराच्या प्रभावाखाला ताचो कार जाला आसूं येता.

गोंयांत शांतादुर्गा (कवळें), शांतादुर्गा (फातर्पे) हांगां भव्य तेर (रथ) आसात आनी हांगचे तेर उत्सव बरेच लोकप्रिय आसात.

– सं. मं.

कारवालो, आउगुश्तु जुझे मारिया द. : (जल्म : ?; ओर्ली – साश्टी)

गोंयकार क्रिस्ती धर्मफुडारी. मिलापूर वाठारांत तो मिशनरी आशिल्ली. १८८९ ते १८९१ वर्सा मेरेन ताका मिलापूर वाठारांतलो व्हिकार जनरल (Vicar General) केलो. उपरांत १८९१ ते १८९५ वर्सा तो तंजावर आनी कोरोमान्डेल वाठारांतल्या मिशनाचो व्हिकार जनरल जालो. फुडें १८९५ ते १८९९ वर्सा तो घाट ह्या वाठारांत आनी १९०० ते १९०३ वर्सा कानारा वाठारांतलो व्हिकार जनरल आशिल्लो. १९२१ वर्सा तो गोंयच्या आर्कीडायोसिजीचो गव्हर्नर जालो. अखेर १९३१ ते १९३४ वर्सा मेरेन तो कोचीन शारांतलो डायोसिजीचो गव्हर्नर आशिल्लो.

– सं. मं.

कारवालो, जुजे : (जल्म : सांकवाळ) क्रिस्ती धर्म फुडारी. फादर जोसेफ व्हाज हाचो भाचो. श्रीलंका देशांतल्या कॅन्डी वाठारांत रोगांची धाम आयली, तेन्ना ताणें वायटकारांक जेवण-खाण दिवपाचो वावर सुमार वर्सभर केलो. त्याच वांगडा हे धार्मीत मरण आयिल्ल्या वायटकारांक

पुरपाचो वावरूय ताकाच करचो पडलो. ताणें एक हजारांवयर हेर धर्मीक लोकांक क्रिस्ती धर्मांची दिक्षा दिली.

– सं. मं.

कारवां : (मराठी : कारवी, कन्नड : गुर्गी, संस्कृत : करीर, लॅटीन : कारषिया कॅलोसस) सुमार १.८ ते ६.२० मी. उंचायेचेर वाडपी वनस्पत. हाचें खोड खडबडीत आनी बारीक दांड्यासारकें आसता. हे झाडाच्या पानांची लांबाय १०–२३ सेंमी आसता आनी रूंदाय ४–८ सेंमी आसता. हीं पानां एकामेका सामकार आनी दर एक जोड एका दुसऱ्यापरस ल्हान, भाल्यासारकीं, तोंकाद आसता. ह्या पानांचो रंग वयल्यान गाड पाचवो आसता आनी पोंदच्यान लेव पाचवो आसता. हे झाडाक फुलांय फुलतात. हीं फुलां एकामेका लागीं आनी आकारान ल्हान आशिल्ल्यान तुऱ्यांसारकीं एकेकडेन आसतात. हीं फुलां केळ्यां–बोंडां आकाराची, लांबट–गोल आसता. फुलांच्या सकयले वटेन जंय रूंदाय आसता थंय मात्सो धवो रंग आसता आनी वयलेवटेन जंय अशीर आसता थंय गुलाबी रंग आसता. जशे जशे दीस वता तशें तशें ह्या फुलांचो धवो रंग पोंदच्यांतल्यान वयर पसरता आनी फुलां धवीं पडटा. हीं फुलां सप्टेंबर – नोव्हेंबर म्हयन्यांत सात–धा वर्सांतल्यान एकदां फुलतात. हाच्यो पाकळ्यो रंगान पाचवीं गुलाबी, खोलाय आशिल्ली, चिकट आनी उग्र वासाची आसतात.

हें झाड कसल्याय हवामानांत जियेता. ताका किडी लागनात आनी कसलेंच तरेचें सारेंय लागना, कारण तें चडकरून दाट रानांनी वाडटा. हें झाड रानांत जावपी, व्हड झाडांपोंदा वा तांचेमदीं वाडपी एक ल्हान वनस्पत. पूण तीं कोंकणांत दाट रानांनी दिसतात. हें झाडाचें खोड, लाकूड, ताची फुलां तशींच ताची पानां खूब उपेगी पडटा. हे झाडापासून घरगुती तशेच वखदी उपेग करपाक मेळटा. झाडां वयल्यान वयर भेणावन, उपरांत आयिल्ल्यो बारीक खांद्यो घरांचेर पाखे करपाक आनी कुडांखातीर वणटी करपाक उपेग जाता. हे झाडांची लाकडां जळोव म्हणुनूय उपेग करता. तेभायर ताचें वखदी उपयोग जात. ह्या झाडाच्या खोडाची साल दूक पयसावपाखातीर उपेगाक पडटा. पांय वा हात तिरपलो आसत, तर खोडाच्या सालीचो लेप करून सूज आयिल्ल्या भागाच्या भायलेवटेन लायतात. कसलोय घावो जालो आसत तर, फुलां चेंचून लेप लायल्या उपरांत घावो रोकडोच पेकून येता. ह्या झाडाची ताजी पानां शक्तिवर्धक आनी जोर निवळून हाडपाक उपेगाक पडटा म्हणून खेडे गांवांत रावपी लोक ह्या पानांचो उपेग चडकरून करतात. जनावरांय हाची पानां खातात. वयर सांगिल्लें कांय वखदी उपाय स्वता करचे पयलीं दोतोराचो सल्लो घेवुनूच करचे.

– सं. मं.

कारवार : कर्नाटक राज्याच्या उत्तर कन्नडा जिल्ल्याचें ठाणें. हें मुंबयचे दक्षिणेक ४८८ किमी. गोकर्णाचे उत्तरेक ५६ कि. मी. आनी गोंयचे दक्षिणेक सांवन थोड्याच अंतराचेर, दर्यादेगेवयल्या बैतकल उपसागराचेर, काळी न्हंयेच्या मुखाकडेन आसा.

भगवान परशुराम हाणें आपणें जोडिल्ली भूंय दान केल्याउप्रांत, आपल्याक रावपाक जेन्ना जागो उरलो ना, तेन्ना आपलो बाण मारून, समुद्राक फाटी काडून, जागो निर्माण केलो आनी त्या जाग्यार 'सप्तकोंकण'



कारवार प्रवेश दार

अशें नांव दिलें. ही सप्तकोंकण भुमी सुरतच्यान कन्याकुमारी मेरेन आसा, अशें जाणाकारांचे मत आसा. हातूंत सप्तकोंकण वाठारांत 'कारवार' प्रांत येता. एका वटेन अरबी सागर, पूर्व दिकेच्यान येवपी काळी न्हंय, तर दुसरे वटेन दाट रानांनी भरिल्ले पाचवेंचार दोंगर अशें सैमीक देणें, असो वाठार कारवाराक लाबला.

'कारवार' ह्या शब्दाची उत्पत्ती 'कडवाड' ह्या शब्दावयल्यान जाली. शिर्शी सौंदेकराच्या मळ्यांतलीं मिरयां हांगाच्या कडवाड बंदरांतल्यान भायल्या देशांत निर्यात जातालीं. हो वेपार पळोवन ब्रिटीश अधिकारी विल्यम कॉटय हाणें मिरयांचो वेपार करपाक कारवारच्या कडवाड वाठारांत नवी वखार सुरू केली. ब्रिटीश लोकांक कडवाडचो उच्चार सारको करपाक कळना जालो. देखून, कडवाडचो उच्चार 'कारवार' म्हण करपाक लागले. तेन्नासांवन हो वाठार 'कारवार' म्हण नांवा रुपाक आयलो.

कारवारचे आनीक पोरने नांव 'कोणे'. कोणे म्हळ्यार 'कोनसो'. पयलीं कारवार हो वाठार मुंबय प्रदेशांत एका कोनशाक आशिल्लो. तेन्ना हो 'उत्तर किनारा' जिल्लो म्हण प्रसिद्ध आशिल्लो. उपरांत कर्नाटकांत हो भाग पडलो तेन्नासांवन 'उत्तर कन्नड' जिल्लो अशें नामकरण जालें. १३ व्या शेकड्यांत विजयनगर साम्राज्यान हांगा राज्य केलें. मागीर विजापुरच्या आदिलशहान हांगा राज्य केलें. त्यावेळार चित्ताकुला हांगा आदिलशहान एक लश्करी तळ उबारलो. ह्याच वेळार उत्तरेकडचे चौल बंदर हातांतल्यान गेल्या उपरांत कारवार बंदर आदिलशहाच्या उपेगी पडलें. इतिहास काळांत ही वेपारी पेठ आनी विजापूर राज्यांत देसायांचें ठाणें आशिल्लें. भोज सामंत, गोंय – कदंब, सिमुखया, पल्लव राजांच्या अधिपत्त्याखाला वेगवेगळ्या काळांत



कैगा प्रकल्प

कारवार आयलां. १९३८ त ब्रिटीश लोकांनी हांगा वखार घाली. मागीर मलमल, मिरयां, वेलची, निळें दडस 'डंगारी' कापड ह्या मालाचींनिर्यात हांगासावन जावपाक लागली. शिवाजीन कारवारचेर दोन खेपो धुरी घाली. ब्रिटिशांवांगडा पोर्तुगेज आनी डचांनीय हांगाच्यान वेपार सुरू केलो. १६९७ त मराठ्यांनी कारवाराचेर परत धुरी घाली. १७१५ त सौंदेकार संस्थानिकान पोरनो किल्लो मोडून, सदाशिवगड बांदलो. १८०१ त पोरने कारवार नश्ट जाले. ते उपरांत मुंबय – कोचीन मार्गावेलें एक सुरक्षीत बंदर म्हूण हाका म्हत्व आयलें.

ह्या वाठारांत सगळे जाती-धर्माचे लोक रावतात. हांगाचे उत्सव, भेस, जेवण – खाण, धार्मीक कार्यां कोंकणांतल्या हेर वाठारांसारकींच आसात. आयज जरी कारवार वाठार पर्यटनाच्या नदरेन फाटीं आसलो, तरी हांगा विवीध सैमीक सोबितकाय मेळटा, कांय प्राचीन देवळां हांगा आसात. देखीक, श्री. शेजेश्वर देवस्थान, श्री रामनाथ देवस्थान, पोरणो श्री गुरूमठ आनी श्री गौढपादाचार्य कवळे मठ, आनी सगळ्यांत प्रसिद्ध कारवारचे देवस्थान म्हळ्यार श्री सातेरी देवस्थान. वर्सांतल्यान फक्त सात दीस हिचें दर्शन घेवपाक मेळटा. पुराय गोंयांत स्थायीक जाल्ले कारवारी लोक हिचें दर्शन घेवपाक मुद्दाम वतात. माजाळेची तिळमाती वेळ, देवबाग वेळ आनी हांगाची प्रसिद्ध टागोर वेळ ह्या सारकीं पर्यटन थळां प्रसिद्ध आसात. अशें म्हण्टात, की एका काळार नामनेचो कवी रवींद्रनाथ टागोर वेळेर येवन कविता रचताले आनी ताका लागून तेवेळेक 'टागोर वेळ' हें नांव पडलां. रवींद्रनाथाचो भाव सत्त्येंद्रनाथ हाची कारवारांत न्यायाधीश म्हणून बदली जाल्ली. तेन्ना आपले २२ वर्सांचे पिरायेर रवींद्रनाथ, मार्च १८८३ त कारवारा आयिल्लो. तेन्ना हांगच्या सैमीक सोबीतकायेचेर ताणे

तोखणाय केल्ली.

ताणे बरयलां : The sea beach of Karwar in certainly a fit place in which to realise that beauty of mature, is not a mirage of imagination, but reflect the joy of the imfinite and thus draws us to lose Qurselves.

ताणे बरयल्लें 'वसुंधरा गीत' ह्या काव्याचे प्रेरणेंत आनी अभीव्यक्तींत कारवारच्या सैमीक गिरेस्तकायेचो अंश आसा अशें मानतात.

उपसागरांत ल्हानल्हान जुंवें आसून 'ऑयस्टर रॉक' ह्या खडपाचेर दिपस्तंभ आसा. मुंबयसांवन बोटीन, तेचप्रमाण हुबळीच्यान अर्बेल १५० किमी. मोटरमार्ग आसा. बरें सायल, रानांतलें लाकूड, कोंडे तशेंच तांदूळ, नाल्ल, तशेंच बांगडे, ताल्ले आनी सांगटां ह्या जातिंचें नुस्तें आनी सुकें नुस्तें हांचो वेपार हांगा चलता. कारवारची धवे रेंवेची, लांब आनी ओडलावणी दर्यावेळ, सुरूचीं दाट रानां आनी भोंवतणची सृश्ट पळोवपासारकीं आसा. रानांतल्या लाकडांचो आनी वेळेवयल्या रेवेंचो एक उद्योग म्हणून हांगा बरेतरेन चलता. कारवारची भुगोलीक सुवात आनी मांडावळ लक्षांत घेवन थंय १९८९ वर्सा 'सी बर्ड' नांवाच्या नावीक ताळाची थापणूक केल्या.

हो कोंकणाचो भाग आशिल्ल्यान हांगाच्या थळाव्या मनशांची भास कोंकणी आसा. हे कोंकणीक कारवारी, 'कोंकणी' म्हणटात. कन्नड आनी मराठी भाशीक लोक हांगा कांय प्रमाणांत रावतात. कोंकणीच्या इतिहासांत कारवाराक व्हड मानाचे स्थान आसा आनी कोंकणी इतिहासाच्या पुस्तकांत कारवारचे नांव भांगरा अक्षरांत बरोवंक शकतात. हाचें कारण म्हळ्यार, ८ जुलैय १९३९ वर्सा पयली वयली कोंकणी परिशद हांगा स. माधव मंजुनाथ शानभाग हांच्या फुडारपणाखाला स्थापीत जाली. आयज ही संस्था कोंकणींतली एक म्हालगडी संस्था म्हूण काम करता. ह्याच प्रेरणेन हांगा कोंकणी संस्कृती मंडळ आनी कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिश्टान सारकी संस्था स्थापीत जाल्यो.

एका कोंकणी लोकगीतांत कारवाराचो उल्लेख असो आयला. ''एक रुपया दिगो म्हाकां खर्चाकू, कारवारच्या केंसराच्या लग्नाकू.''

– संदेश श्रीकांत बांदेका

– सं. मं.

कारवो (कार्गो, कार्बो) : एक बाटले आकाराचें व्हडलें आयदन. तें कंवचेचें आसता. ताचो गळ्या सकयलो भाग बुयांवांसारखो आनी गळ्यावयलो भाग बाटलेच्या तोंडा भशेन नळयेसारको आसता. ताचें पुराय आंग घट्ट अशा बेंतांच्या (वातड तणाचो प्रकार) धाग्यांनी विणून धांपता. ही धांपणी कारव्याचे कंवचेक संरक्षण दिता. ह्या धाग्यांनीच तयार केल्ली, बोट घालूंक मेळटा अशी मूठ गळ्याकडेन आसता. कारवो मुखेलपणान माडा–फेणी वा काजी – फेणी दवरूंक तशें तिका एका जाग्यावयल्यान दुसऱ्या जाग्यार व्हरपाचें साधन – आयदन म्हणून वापरता. हेर तरेचें द्रव वा पेय दवरपाखातीरय तें वापरूं येता.

माडा–फेणी वा काजी – फेणीचें तोलपाचे (मेजपाचे) माप म्हणुनूय कारवो वापरता. सोऱ्याची खरेदी विक्री ही लिटरांनी वा शेरांनी करीना. ती कळसो (मातयेचें आयदन) वा कारवो ह्या मापांनी करता. अमके कळशे वा अमके कारवे सोरो, अशें तें मेजपाचें गणीत आसता. आतांच्या काळांत, कंवचेच्या

कारव्याक लागून, कारव्यावरवीं सोऱ्याची हाड-व्हर करप जतनायेचे नदरेन कठीण जाता जाल्ल्यान, कारव्याचे सुवातेर प्लास्टिकाचे कॅन वापरप लोक पसंत करतात. पूण फेणी सारखें पेय कंवचेच्याच आयदनांत, ताच्या निजाच्या रुपांत बरेतरेन रावूंक शकता म्हणून, आजय थोड्या प्रमाणांत तरी लोक कारवे वापरतात.

– सं. मं.

कारातें : (मराठी : कारले, हिंदी : कारेला, गुजराती : कारेलो, कन्नड : हागलकाई, संस्कृत : कंदुरा, इंग्लीश : कॅरिलाफ्रूट, लॅटीन : मॉमोर्डिका)

एक वखदी वनस्पत. तशेंच ज्ञायत्यो पाकळ्यो आशिल्ली द्विदल वनस्पत. हे वनस्पतिची लांबाय ३ ते ६ फूट. हे वनस्पतीक जायत्यो खांद्यो आसतात. कांड कोन आनी खाचीं आशिल्लें. हाची पानां सादीं, वाटकुळीं, हाता आकाराचीं, अर्दकुटीं वेगळायल्लीं आनी मात्शीं केंसाळ आसतात. साद्या दावकुलांनी ही वाल वयर चडटा. हे वालीक फुलां फुलतात. हीं फुलां गाड हळडुवीं आनी आकारान ल्हान आनी एकलिंगी आसतात. हे वालीक फळांय लागतात. हीं फळां तरनीं आसतनाच पाचवीं आसतात. हीं पिकिल्लीं फळां गाड केसरी रंगाची आसता, तांची लांबाय ४ ते ८ इंच आनी रुचीक कोडू आसता. तांचें कातिचेर ल्हान–व्हड फोड आसतात. हे फोड दिसपाक सारके मानग्याचे कातिवयल्या फोडासारखे दिसतात. जेन्ना हें फळ चड पिकता, तेन्ना तें फुट्टा आनी तातुंतल्यान शेंदुरी रंगाचें भितरले आंग दिश्टी पडटा. बियो १/३ ते १/२ इंच लांब, चेपट्यो, गोबऱ्यो आनी कडेकडल्यान भागाक मिरयो पडिल्ल्यो आसतात. दक्षीण भारतांत वेगवेगळ्या णव प्रकारांचीं लागवड करतात. उत्तर भारतांत, उबाळांत 'जेठुया' आनी पावसाळ्यांत 'बारमासिया' अशो दोन जाती पिकयतात. धवीं, लांब आनी पाचवीं, मोटवीं अशो दोन जाती हे वनस्पतींत आसा. धवे वालीक लांब काराती येतात.

कारातें ह्या फळ भाजेची लागवड उश्ण कटिबंधीय वाठारांत कशिल्ल्या, पिकाळ आनी उदकाळ जमनींत करतात. हे जमनींत १.५ मी. ते २ मी. अंतराचेर आळीं करून, सारें घालून बियो घालतात. ह्या वनस्पतिचें चडशें स्वतंत्र अशें पीक काडिनात. लागवडी उपरांत सुमार दोन म्हयन्यांनी हे वनस्पतीक फळां येवंक लागतात. आळ्यांत खूट लावन ताचेर ही वाल चडयल्यार ती बरी वाडटा आनी फळांय भरपूर येतात. भाज्जेखातीर दोन म्हयनेमेरेन तरनीं फळां मेळूंक शकतात. मर, कीड, केवडा, डाऊनी मिलड्यू, भुरी, कोनीया टिक्का, मोझेक, हे कारात्याक लागपी रोग. ह्या दर एका रोगांविशीं तशेंच तांचेर आळाबंद हाडपाक उपायाविशीं माहिती फुडें दिल्या.

मर : हो रोग पानांर, देंठार आनी कांडाचेर पसरून

झाड मरता. ज्या जिवांपसून हो रोग जाता तांचो बंदोबस्त करून ह्या रोगाक आळाबंदा हाडूंक येता.

कीड : पैंगीळ, मावा, जीव, किडी हाचेर आळाबंदा हाडपाक १० टक्के बी. एच्. सी. हो पिठो मारतात. तेचपरी मॅलॅथिओन वा फॉलिडॉल हाचो फवारो मारतात. कारात्याच्या पिकाक बारीक जिवांची बादा जावची न्हय म्हूण नेमॅगोनाची जमनीक धुंवरी दितात.

केवडा : बुरशी भशेन, हरितद्रव्यरहित सुक्ष्म वनस्पतींक हो रोग जाता. जाचेखातीर पानांचेर ल्हान हळडुवें वा उदकान भिजिल्लेवरी भाग दिसतात. २८ ग्राम पारायुक्त कवक नासख, २८ ते ३२ लिटर उदकांत भरसून तातूंत बियो पांच मिनटां बुडोवन लायतात. पिकांचेर ताम्रयुक्त कवक नाशकाचो फवारो मारतात.

डाऊनी मिल्ड्यू : कवकजन्य रोगाखातीर पानांचे पयले वटेन हळडुवे वा तांबशे तपकिरी थिपके पडटात. तेन्ना दर हेक्टर प्रमाण १५-२० किग्रॅ. ट्रायबेसीक कॉपर सल्फेटाची भुकटी मारतात. पामेट्टो पी. आर. २७ सॅती आनी पॅलोमार ह्यो रोग प्रतिकारक्षम जाती मेळटात.



भूरी : ह्या रोगाखातीर जून पानांचेर सकयलेवटेन धवे थिपके पडटात. कांडाचेरूय हो रोग जाता. देखून दर हेक्टर प्रमाण २५-४५ कि. ग्रॅ. रॅथेनचो पिठो मारतात.

कोनिय टिक्का : ह्या रोगाखातीर पानांर आनी फळांचेर थिपके दिसतात. पानांचे शिरे लागसर येवपी हे थिपके करडे आनी हळडुवे जातात. ह्या रोगाक आळाबंदा हाडूंक उदकांत भरसण जावपी पारायुक्त कवकनाशकाची बियांचेर प्रक्रिया करून त्यो बियो परतून धुवून ताची लागवड करतात. स्ट्रेप्टोसायक्लिनाचो फवारो मारल्यार ह्या रोगाक आळाबंद हाडूं येता.

मोझेक : हो व्हायरसजन्य रोग, माव्यावरवीं पातळटा. ताका आळाबंदा हाडपाक शॅमरॉक इलिमा, ओहायओ - एम् - आर - २००, ओहायओ - एम् - आर - १७ आदी रोगप्रतिकारक्षम जाती लायतात.



कोंकणांत चड करून गांवगिऱ्या वाठारांत जायत्या जाणांच्या पोरसांत कारात्याची वेल माटवार चडयल्ली पळोवंक मेळटा.

कारातें भलायकेखातीर उपेगी थारिल्ल्यान ताचो जेवणांत वापर खूप बरे तरेन जाता. कारातीं भाज्जेखातीर उपेगी पडटात. ताची कोडसाण वचपाक, फोडी करून उदकांत घालतात वा मिठाच्या उदकांत बुडोवन दवरतात. उपरांत

तांचे जेवणांत तरेकवार प्रकार करतात. देखीक : फोडी, भाजी, रायतें, चटणी, कारात्याचो कुंवळ, आदी., कारात्याचो वापर फकत जेवणां पुरतोच जायना, तर ताचो वखदी उपेगूय खूप बरेतरेन जाता.

कारात्याचीं पानां, फुलां आनी मुळांनीं वखदी गुणधर्म आसात. भूक कमी लागप आनी अपचनाच्या वेळार कारात्याच्या फळांचो सालिंचो रोस काडून पोटांत घेतात. कारात्याचो रोस पोटांत घेतल्यार फिग्दाचें कार्य सुदारपाक आनी पोटा संबंदीत पिडा बऱ्यो जावपाक मजत जाता. बिकाच्या त्रासांत तशेंच दंत जाल्यार ह्या रोसाचो उपेग करूं येता. एकाद्याक धांप लागता वा खोंकली येता आसत जाल्यार हो रोस घेतल्यार गूण पडटा. बायलांक वा आंकवार चलयांक म्हयन्याची पाळी येना आसत जाल्यार लेगीत वयलो रोस पोटांत घेवचो. कारात्याचो रोस अर्दो कप, चार दिसां आड घेतल्यार, रगतांतले साकरेचें प्रमाण उणें जाता आनी गोडेमुताच्या दुयेंसांतलीं लक्षणां कमी जातात. काळजाची पिडा आशिल्ल्यांक कारातें बरेंच गुणकारी आसता. कारात्याच्या त्या कोडू रुचीक लागून खुबशा जाणांक तें खावपाक आवडना, तरीय ताचें वयलें गूण मतींत घेवन भलायकेखातीर कारातें खावचें.

लग्नां-कार्यांक वा हेर खंयच्याय सुवाळ्यावेळार जेवणां-मेजार तरेकवार भाज्यांचो वापर करून तांचेर कोरीव काम करून जेवणां-मेजाक सोबाय हाडटात. अशा वेळार कारात्याचोय उपेग करतात. जेन्ना वॅजिटेबल कटींग सर्ती आयोजीत करतात, तेन्ना कारात्याक उंदराचो आकार दितात. कारण ताका उंदराभशेनूच फुडें तोंड आनी तेंगशेर एका उंदरा शेपडे सारकोच पातळ देठ आसता. तें पळोवपाक सारकें उंदरासारकेंच दिसता. चवथीवेळार माटोळेक हेर फळ भाज्यां वांगडाच कारातींय बांदतात. "साकरेंत तळलें तरी कारातें कोडू तें कोडूचं" अशी कोंकणी म्हण आसा.

– सं. मं.

कारात्याचो कुंवळ : साहित्य : १ कारातें, १, वाटी सोय, $\frac{१}{२}$ वाटी गोडशें धंय, २ हरव्यो मिरसांगो, १ चमचो सांसवां, १ सुपरियेदें गॉड, थोडी आमटाण, मीठ आनी १ चमचो तेल.

रीत : बियों भायर काडून, कारातें तासून आनी पातळ बारीक फोडी करून तव्याचेर मंद गॅसाचेर हून करच्यो. चमचोभर तेल घालून काळशो जायसर भाजच्यो. सांसवां तव्याचेर सुकींच फुरफुरावचीं.

सोय, हरव्यो मिरसांगो, मीठ, गॉड, सांसवां आनी कारात्याचे कुडके घालून बारीक वांटचें. बारीक वाटिल्ली ही गुळी काडची आनी थोडें उदकय काडचें आनी धंयांत घालची. धंय आंबट आसल्यार आमटान घालची न्हय. रूचीक आमट जाय जाल्यार आमटाण थोडी पिळून घालची.

– सं. मं.

कारांदो : (मराठी – कारंदा, हिंदी – रातालू, गुजराती – गोराडू, कन्नड – टेग्गेनस्, इंग्लीश – पोटॅटो यॅम, लॅटीन – डायॉस्कोरिया बुल्बिफेरा.)

कारांदो हें एक मूळ जावन आसा. तो वालीक जाता. कारांदो वालीक वयर आनी जमनींत अशे

दोनकडेन जातात. तातूंत खाण सांठोवन दवरिल्लें आसता. ताच्या आंगाक फोड आसतात. कारांद्याचे सालिवेले फोड जेन्ना सुळसुळीत जातात, तेन्ना कारांद्याची वाल सुकता आनी कारांदो काडपासारको जाता. कारांदो जमनींत एके वालीक एकूच जाता जाल्यार वयर पानांच्या देंठा कणकणी कारांदे जातात. जमनिंतलो कारांदो वयर जावपी कारांद्याच्या मानान मोटो आसता. कारांद्याचे वालिचीं पानां रूंद आनी काळजाच्या आकाराचीं आसतात. वालीक फुलां फक्त तेंगशेरूच येतात, तीं सकयल्या भागाक येनात. कारांद्याचें फूल एकलिंगी आसता. काळो कारांदो आनी धवो कारांदो अशें कारांद्याचें दोन प्रकार आसात. काळ्या रंगाचे कारांदे खावपाक गोड आनी रूचीक आसतात. ते भलायकेकय बरें. देखून ह्या कारांद्याची लागवड करतात. धवो कारांदो चडकरून आपशींच जाता. पूण तो कडू आसता. पूण हो कारांदो तासून व्हांवत्या उदकांत पंदरा दीस निवळपाक दवरीत जाल्यार तो खावपासारको जाता. गोंयांत लोकांच्या पोरसानीं चड करून गोड कारांदो आसता.

काळे कारांदे उकडून, भाजून वा भाजी करून खातात. कारांदो सुकोवन ताचें पीठ करून तें मूळव्याध (बीक) आमांश, उपदंश आदी पिडांचेर म्हूण वापरतात. कोणाकूय घुंवळ आयल्यार कारांदो तापोवन माथें शेंकतात. जोर तकलेक मारतकच लेगीत कारांदो तापोवन तकली शेकोवन घाम काडटात. धव्या कारांद्यांची चडकरून म्हानां करतात. चवथीक माटोळेक चडकरून धवो (रानवटी) कारांदो बांदतात. ''कारांद गेली मारांदेगेर; कारांदेकूय कांटे मारांदेकूय कांटे'' अशी कोंकणी म्हण आसा.

– सं. मं.

कारापुरकार, निळकंठ (निकुबाब)

मंगेश : (जल्म : १९०५, बोर्डे, मडगांव, मरण : १४ फेब्रुवारी १९८८, पणजी).

व्हड गांधीवादी, त्यागी आनी उच्च विचारसरणी अशी जीण जियेवपी गोंयचो सुटके झुजारी. बापूय मुंबय उच्च न्यायालयांत काम करतालो. ताणें प्राथमीक शिक्षण मराठी, पोर्तुगेज आनी इंग्लिशिंतल्यान घेतलें. ताका हिंदी, गुजराती आनी संस्कृत भाशेचें गिन्यान आशिल्लें.

१९२० वर्सा सांवन ताचेर गांधींचे चळवळिचो खास करून अहिंसावादाचो खर प्रभाव जाल्लो. हाचो परिणाम म्हूण ताणें आपलें आवडिचें नुस्तें खावपाचें सोडलें. खादीचे कपडे वापरूंक घेतले आनी सादे रितीन रावपाची पद्धत आपणायली. वसाहतवादाआड झुजपाची ताची खर इत्सा आशिल्ली. १९४० वर्साचे सुर्वेक तो दिवचल वाठारांतल्या वाचनालयांत वावर करतालो, तेन्ना ताणें रामनाथ कडकडे हाच्या पालवान तरनाट्यांक एकठांय केले. तांकां ताणें हातीपत्रकांच्यो चक्रप्रती, डॉ. टी. बी. कुन्य हाची पुस्तिका आनी मुंबयसांवन उजवाडाक येवपी ॲंग्लो लुझितानु (Anglo Lusitano) हें नेमाळें वांटलें. १९४३ वर्सा ताणें आनी पुरुषोत्तम काकोडकार हाणें मेळून मडगांव शारांत गोंयचे राजकी जागृतायेखातीर 'गोवा सेवा संघ' नांवाची संघटना स्थापली. डॉ. लोहियान १८ जून १९४६ दिसा पोर्तुगेजाआड नागरी हक्कांखातीर केल्ल्या सत्याग्रहांत ताणें वांटो घेतिल्लो. पोलिसांनी ताका धरलो आनी कांय काळ बंदखणींत दवरलो. फुडें तो मडगांव शारांत प्रभात फेरी काडप, प्रार्थना घेवप असलीं कामां करतालो. २८ सप्टेंबर १९४६ दिसा जॉर्ज व्हाज आनी फाकु पोकळे हांचे वांगडा तो सांखळे वाठारांतल्या बाजारांत सत्याग्रहांत

वांटो घेवंक गेल्लो. तेन्ना पोलिसांनी ताका धरलो, उपरांत दिवचलच्या न्यायलयांत ताची चवकशी जाली आनी रोकडीच सुटका जाली. 'राश्ट्रीय काँग्रेस गोंय' संघटनेखातीर तो तळमळीन वावर करतालो. हे संघटनेची करमळी वाठारांत परिशद भरिल्लीं, तातूंत ताणें मानादीक सोयरे म्हूण वांटो घेतिल्लो. १५ डिसेंबर १९४७ दिसा पांडुरंग पी. शिरोडकार, डॉ. विनायक मयेंकार आनी गिल्येर्म दे सौझ (तिकलो) ह्या सुटके झुजाऱ्यांवांगडा ताका अटक जाली आनी आग्वाद बंदखणींत दवरलो. गोंयच्या प्रादेशीक लश्करी न्यायालयांत चवकशे उपरांत, २० ऑक्टोबर १९४६ दिसा ताका पंदरा वर्सां 'काळ्या पाण्याची' ख्यास्त फर्मायली. आग्वाद बंदखणींत साडेपांच वर्सां ख्यास्त भोगतकच ताका १ जून, १९५५ दिसा नारायण एच्. नायक, मुकूंद कामत धाकणकार, जयवंत कुंदे आनी हेर सुटके झुजाऱ्यांवांगडा आंगोलाक 'फोर्त रोझादश' (Forte Rosadas) बंदखणींत धाडलो. १२ मे १९५६ ह्या दिसा थंयच्यान ताची सुटका जाली. पूण ताका भारतांत धाडिनासतना ताची आंगोलांतल्या लुबांगो (Lubango) हांगाचे से द बांदेयूरा हे सुवातेचेर रवानगी केली.

ताणें आंगोलाचे सुटके चळवळींत वांटो घेतला, ह्या दुबावान ताका से द बांदेरा हांगा परतो धरलो. उपरांत ताका मार्च १९६१ वर्सा सांवन चार म्हयने बंदखणींत दवरलो. जुलय १९६१ त ताका आनी पांडुरंग पी. शिरोडकार हाका आंगोला सांवन 'व्हेरा क्रूज' (Vera cruz) बोटीन लिश्बोअ शारांत व्हेलो. १९६१ त 'व्हेरा क्रूज' बोट लिश्बोअ शारांत पावतकच थंय ताका मेकळो सोडलो. पूण थंय णव म्हयने तो नदरकैदेंत आशिल्लो. गोंय सुटके उपरांत ताका हेर तीग जाणां वांगडा कराचींत धाडलो. थंयच्यान ८ मे १९६२ दिसा तो गोंयांत पावलो.

सुटके चळवळिच्या काळांत समाजीक उदरगती खातीर आनी खादीचो प्रसार करपाखातीर तो वावुरतालो. १९६४ वर्सा सावन हरिजनाक आदार दिवचे पासत आनी गरीब विद्यार्थ्यांक शिक्षण मेळचें म्हूण दिवचल वाठारांत तो सर्वोदय आश्रम चलयतालो. दिवचल वाठारांत ताणें कोंकणी केंद्राची थापणूक केली. तो गांधीवादी आशिल्लो. जल्मभर ताणें गांधीचीं तत्वां पाळ्ळीं. कोंकणी भाशेचे उदरगतिखातीर ताणें तळमळीन काम केले. तो लग्न जालो ना. १८ जून १९८१ दिसा गोंय सरकारान सुटके झुजांतल्या ताच्या वावराचो भोवमान केलो.

– सं. मं.

कारीट : (मराठी – कारीट, हिंदी – जंगली इंद्रायण, गुजराती – कोठीबान, संस्कृत – विशाला, लॅटीन – कुकुमिस ट्रायगोनस.)

एक वखदी फळ. चड करून हें पावसाळ्यांत वालीक जाता. काट्टाचे वालीक 'काट्टीण' म्हणटात. ही वाल आपशीच जाता. काट्टाची वाल आनी पानां खरखरीत आसतात. तिचीं पानां पांच कोनशांची (हाता आकाराची) आसतात. वालिच्या कांडापरस पानां कमी खरखरीत आसतात. ही खरखरसाण सुयेपरस बारीक आंगभर पातळिल्ल्या कांट्यांक लागून येता. पानां कणकणी ही वाल लांब हात (tendrils) सोडटा. ताका लागून ते वालीक झाडार चड वयर चडपाक येना. ती जमनिरूच चड पातळटा. काट्टिणीक हळडुव्या रंगाची फुलां फुलतात. ह्या फुलांक एकामकोंक दशिल्ल्यो पांच पाकळ्यो आसतात. देखून फुलांचो आकार कोपांसारको

दिसता. फुलां वांगडा तोरो आसता आनी त्या तोऱ्याचें उपरांत काट्ट जाता.

तोरो ल्हान आसतना, ताच्या आंगार सांसवां सारके दिसपी काळे कांटे आसतात. कारीट जून जालें म्हणटकच हे कांटे झडून आंग सुळसुळीत जाता. कारीट आनी काट्टीण दोनूय पुराय कोडू आसतात. कारीट वाटकुळें, लांबट आसता. सुरवातीक ताचो रंग पाचवो आसता, उपरांत तें जून जाता आनी धवसार जायत वता. पिकतकच, मात कारीट मोव जाता. वाल सुकली उपरांत कारीट झडटा.

पयलो पावस पडलो तशें काट्टाचें बीं किल्लता आनी तिचेपसून वाल जाता. काट्टाभितर खूब बियो आसतात, त्यो आठ ते धा खणांनी गोरोपांत रचिल्ल्यो आसतांत. बियो धव्या रंगाच्यो, मोटव्यो आनी चेपट्यो आसतात. काट्टीण चड करून शेणागायरीकडेन वा जंय शेण आसता, असल्या जाग्यांनी जातात. हाचें कारण म्हळ्यार गोरवां काट्टां खातात, तांणी खाल्ल्या काट्टांच्यो बियो तांच्यो शेणांतल्यान जमनीर पडटात आनी तशोच उरतात. पावसांत ह्या बियांक कोंब येवन तांच्यो वाली जातात. पावसभर गोरवां काट्टिणीक तोंड लायनात, मात पावस सोंपलो तशी गोरवां काट्टां आनी काट्टीण दोनूय खातात. हे वालीक सारें लागना तशेंच तांकां रोगूय जायना.

भारताच्या सगळ्या भागांनी ही वाल दिश्टी पडटा. चडकरून पावसाच्या दिसांनी गोंयांत चडशा सुवातींनी पळोवंक मेळटा.

दिवाळेच्या अदमासाक काट्टां जून जावन तयार जातात. हिंदू धर्माचे लोक काट्टांक नरकासुराचें प्रतीक अशें मानतात. दिवाळे दिसा सकाळीं न्हांवन, तुळशीकडेन दाव्या पांयाच्या आखाण्यान कारीट फोडटात आनी ताचो कुडको मोडून खातात. अशे हें कारीट फोडप म्हळ्यार नरकासुराक मारप असो



लोकांमदीं समज आसा. दिवाळे दिसा कारीट उश्टायलेबगर कांयच खावंक जायना, अशें मानतात. दिवाळे दिसा काट्टाच्या अर्दुकांच्यो पणत्यो करून तातूंत तेल, वात घालून पेटयतात. दिवाळेच्या आदल्या दिसा म्हळ्यार आश्विन वद्य त्रयोदशी दिसा उदकाच्या आयदनांक, फुलांवांगडा काट्टां गुंथून केल्ल्यो माळो बांदपाची चाल आसा. अशो माळो बांदून सजयल्ल्या उदकाच्या आयदनांनी त्या दिसा घरांत उदक हाडटात. धेणलो पाडव्या दिसा कांय गांवांनी आंगणांत शेणाचो गोठो करपाची (गोठ्याचीं आकृती) चाल आसा. ह्या गोठ्यांत, काट्टांक व्हीर

तोंपून, व्हिरांच्यो पांय, शेंपड्यो लावन तीं गोरवां म्हूण दवरपाची चाल आसा. काट्टाचीं अर्दीं भितल्ल्यो बियो काडून पोकीं करतात आनी तीं आयदनां मानून तातूंत गोठ्यांत दूद – धंय तापत दवरतात वा घालून दवरतात.

कारीट हें वखदी फळ. तें काडून दवरीत जाल्यार घरांत वर्सभर उरता, पूण तें तांदळाच्या कुंड्यांत घालून दवरचें पडटा. पांयार रगत पडून सुजत जाल्यार कारीट फोडून पांयार घालतकच सूज देंवता. हाता–पांयांच्या बोटांक कोंर जायत जाल्यार काट्टाक बुराक मारून तें बोटाक लायतात. ह्या उपायान कोर भितल्ल्या भितर पोकी जाता, म्हळ्यारूच इन्फेक्शन काडून उडयता. कारीट खावप भलायकेक बरें. ल्हान पाडकांक दुदको जायत जाल्यार काट्टिणिचो पालो खावयतात.

– सं. मं.

कार्रेर (कामिन्यांव) : पुर्तुगिजा तेंपावयली एक मिनी बस. फुडल्यान ड्रायव्हराचें कॅबीन, फाटल्यान एकामेका सामकार पॅसेंजराच्यो बसका. सामकें फाटल्यान किलिंडराची (क्लिनरची) सुवात आनी माथ्यार (टापार) सामान दवरपाची वेवस्था अशी तिची रचणूक आसली. ड्रायव्हराच्या कॅबिनाक दोनय वाट्यानी दोन दारां, फाटल्यान मध्यकाक एक दार आनी दोनय कुशिंनी दोन दोन दारां. कार्रेरेक थोडी उंचाय आशिल्ल्यान तिचेर चडपाक दर दाराकडेन पांय दवरपाखातीर स्टॅंडाची वेवस्था आसताली. फुडलो इंजिनाकडलो भाग धातुचो आसतालो तर उरिल्लो सगळो भाग लाकडी आसतालो आनी ताचेर भायल्यान पितुळचो पत्रो बसयताले. सुर्वेक सगळ्योच कार्रेरी ह्यो हॅंडल मारून सुरू करताले आनी तें मारपाचें काम किलिंडराचें आसतालें. उप्रांत 'सेल्फ स्टार्ट' कार्रेरीय आयिल्ल्यो.

कार्रेरिचेर ड्रायव्हर आनी किलींडर अशे दोन कामगार आसताले. ड्रायव्हर ड्रायव्हिंगचें आनी हॅंडल मारपाचें, तिकिटी दिवपाचें, सामान चडोवप देवोंवपाचें, पॅसेंजरांक भितर – भायर करपाचें काम किलींडर करतालो. चडशा मार्गांचेर कार्रेरिचे स्टॉप नासताले. जंय पॅसेंजर उबो आसा आनी जंय पॅसेंजराक देवूंक जाय थंय थंय किलींडर पिल्लूक मारून वा तोंडांतल्यान शिवोणी घालून वा 'राव रे', 'वच रे' अशें म्हणून ड्रायव्हराक कार्रेर थांबोवपाची, सुरू करपाची शिटकावणी दितालो.



आधुनीक काळांत चड सोयिच्यो अशो बसी, मिनी बसी आयिल्ल्यान, कार्रेरी वापरांत उरल्योना आसल्यो, तरी तांचो उल्लेख आजय साहित्यांत मेळटा. गोंय सरकाराच्या पुराण वस्तुसंग्रहालयांत एक दायज – नमुनो म्हणून एक कार्रेर सांबाळून दवरल्या.

– सं. मं.

कारे, दामोदर अच्युत : (जल्म : ४ मार्च १९०९, काकोडें – गोंय; मरण : २३ सप्टेंबर १९८५ मडगांव गोंय)

नामनेचो गोंयकार मराठी कवी, लघु निबंधकार, संशोधक आनी समीक्षक.

कारे, हाचें मुळावें शिक्षण कवळें आनी मडगांवच्या दामोदर विद्यालयांत जालें. ताचें उपरांत सेगुंदग्राव आनी लिसेवाचें पोर्तुगेज शिकप तिसरें वर्स मेरेन केलें. तो एक हुशार विद्यार्थी आसलो. ताणें पोर्तुगेजांतले उत्कृश्ट ग्रंथ वाचून, मनन करून घेतले. ताचें इंग्लिशचें शिक्षण घराच जालें. रवींद्रनाथ टागोर, शरदचंद्र चटर्जी आनी बंकिमचंद्र हांच्या बंगाली साहित्याचो प्रभाव ताचेर पडिल्लो. ताचें घरचें वातावरणय सुसंस्कृत आनी वाचन – लेखनाक परिपूर्ण अशें आसलें. ताचो बापूय एक कवी आसलो. ताचेंखातीर कविवर्य बा. भ. बोरकार हांचेकडेन तांचो ल्हानपणासांवन संबंध आसलो.

१९२५ वर्सा कारे, दामोदर विद्यालयांत नोकरी करूंक लागलो. उपरांत १९२४ वर्सा पुरुषोत्तम श्री निवास सुकेरकार हाणें उजवाडाक हाडिल्ल्या 'हिंदू' ह्या नेमाळ्यांत, संपादक दत्तात्रय व्यंकटेश पै हाचो सहाय्यक म्हण तो काम करूंक लागलो. १९२७ वर्सा सांवन, कारे थंयचे पुराय वेवस्थापनाचें काम पळेतालो आनी थंयच तो साहित्य समालोचनात्मक लेखनूय करतालो.

साहित्या वांगडाच ताणें तरणेपणांत हेर मळार वावर केला. समाज सेवा संघ आनी गोमंतक विद्यानिकेतन ह्या संस्थानी ताणें तळमळीन वावर केला. पद्य लेखना वांगडा गद्य आनी टिकात्मक लेखन, तशेंच संशोधनूय केलां. 'घनश्याम सुंदरा' ही भुपाळी होनाजी बाळाची न्हय, तर विठ्ठल केरीकाराची आसा, हाचेर खोल अभ्यास करून, जायते पुरावे दिवन ताणें ते सिद्ध केलां.

कारे, हाणें मडगांव वाठारांत आपलो 'गोमंतक' छापखानो सुरू केलो. १९३४ वर्सा 'नंदादीप' हो ताचो एकूच कविता संग्रह उजवाडाक आयला. ह्या संग्रहाक कै. वा. म. जोशी हाणें प्रस्तावनां दिल्लीं. आदल्या काळांत 'म्हत्वाच्या सामाजीक', साहित्यीक आनी सांस्कृतीक चळवळिचें मडगांव हें केंद्र आसलें. ताचे खातीर महाराष्ट्रांतले वाङ्मयीन, राजकीय आनी सामाजीक विचारप्रणालींचो कारे हाका बरो परिचय जालो. केशवसूत, भा. रा. तांबे, गोवींदाग्रज, ना. वा. टिळक तशेंच बालकवीं, रविकिरण मंडळांतले माधव ज्यूलियन, यशवंत, गिरीश अश्या कविंचो प्रभाव कारे हाचेर पडलो. लोकशिक्षण, प्रतिभा, ज्योत्स्ना, बागीश्वरी, परिजात, रत्नाकर आनी हेर मराठींतल्या नियतकालिकांनी ताच्यो कविता प्रसिद्ध जाल्यो.

'नंदादीप' ह्या कविता संग्रहांतल्यो कविता, मोगाळ भावनांनी नटलेल्यो, सैमीक वातावरणांचे पडबींब आसलेल्यो कवितेंत संस्कृत तशेंच कोंकणी शब्दांचो उपयोग केल्ल्यो कविता आसात. जश्यो, उषःकाल, सागरास, पावसाळ्यातील दृश्य, शिखरावरून, चांदणे, प्रभातपूजा, सृष्टीच्या आंगणात, बिजेची कोर, दुपार आनी छंदीकरण अश्या कितल्याश्याच कवितेंत सैमीक वातावरण दिश्टी पडटा.

'नंदादीप' हो कविता झेलो उजवाडाक आयल्या

उपरांत ताणें जायत्यो कविता रचल्यो, पूण त्यो पुस्तक रुपान लोकांमेरेन पावल्यो नात. बारिकसाणेन केल्लें नियाळ, सैम, गिन्यानी कल्पकतेचो अप्रूप आविश्कार, शांत आनी सात्वीक भाशेचें पडबींब ताच्या कवितांत दिसून येता. ताची 'स्मरूनी गोमन्त देवी' ही गोंयचे भुगोलीक, सैमीक गिरेस्तकायेन नटिल्लें भुंयेक नमन करपी कविता गोंय तशें गोंयाभायर खूब लोकप्रीय जाली. ते वेळार, गोंयच्या प्राथमीक शाळांनी ही कविता 'गोमंत - गीत' म्हण विद्यार्थी सादर करताले.

१९३० वर्सा सांवन, सां. घ. कंटक हाच्या 'सुबोध' म्हयन्याळ्यांत ताचे काव्य समिक्षेचेर लेख उजवाडाक येताले.

१९६२, पणजी हांगा भरिल्या ११ व्या गोमंतक मराठी साहित्य संमेलनाचे तो स्वागताध्यक्ष आसलो. तशेंच १९८० ह्या वर्सा गोमंतक मराठी साहित्य संमेलनान ताका भांगरापदक दिवंन ताच्या साहित्याचो भोवमान केलो.

– सं. मं.

कारेकार, प्रभाकर जनार्दन : (जल्म : ४ जुलय १९४४, जुवें, सांत इस्तेव गोंय)

एक नामनेचो गोंयकार गायक. कारेकार, हाचो बापूय आनी आजो गवय आशिल्यान भुरगेपणांतूच गायनांचे संस्कार ताचेर जाले.

कारेकार, हाचें मुळावें आनी हायस्कूल मेरेनचें शिक्षण मडगांवच्या न्यू इरा हायस्कूलांत जालें. १९५५ वर्सा सांवन सुरेश हळदणकार हांचेकडल्यान १० वर्सां गायनाचें शिक्षण घेतलें. मुंबयत गेल्लेकडेन पंडित जितेंद्र अभिषेकी हाचेंकडेन गायनाचें शिक्षण घेतलें. उपरांत पंडित सी. आर. व्यास हाचेंकडल्यान ताणें मार्गदर्शन घेतलें.

१९६७ ह्या वर्सा, कारेकार हाणें आपली कला मुंबय हांगा पयली खेप सादर केली. १९७४ वर्सा, पु. ल. देशपांडे हाणें घडोवन हाडिल्ले भीमसेन जोशी हाच्या गायनाचे कार्यावळींत कारेकार, हाणें आपले गायन सादर केलें. गोंयांत सम्राट क्लबाचे वतीन राश्ट्रीय नामनेचें दर वर्सा मास्टर दिनानाथ मंगेशकार संगीत संमेलन घडोवन हाडटा, ताचो सल्लागार म्हूण

तो काम पळेता. सध्या कारेकार हाचो राबितो मुंबयत आशिल्यान थंयच्या नव्या कलाकार तरणाट्यांक ताणें गायनाचे वर्ग सुरू केल्यात.

कारेकार, ख्याल गायकी वांगडाच, ठुमरी, भजन, मराठी भक्ति संगीत, नाट्य संगीत आनी कोंकणी गितांय तो व्हड कुशळतायेन सादर करता. आतांमेरेन ताच्या १६ नाट्यगितांच्यो आनी ४ भजनांच्यो ध्वनी मुद्रिका आयल्यात. 'कैवारी' ह्या मराठी चित्रपटांत ताणें पार्श्वगायक म्हण आवाज दिला. तशेंच रेडिओ आनी टी. व्ही.चेर ताच्यो कार्यावळी सादर जातात. भारतांतल्या कलकत्ता, मद्रास, दिल्ली, मध्य प्रदेश, इंदूर आनी हेर कितल्याशाच शारांनी, तशेंच परदेशांत

अमेरिका, लंडन, दुबय, बाहरीन, मस्कत हांगाय ताणें आपल्या गायनाच्यो कार्यावळी सादर केल्यात.

१९६७ वर्सा, गायनांतली संगीत नाटक अकादेमीचीं शिष्यवृत्ती कारेकार, हाका केंद्र सरकारकडल्यान फावो जाली.

– सं. मं.

कालंबा संग्रहालय : देवळासंबंधीत वस्तुचें संग्रहालय. कासरपाल – गोंयच्या कालिका देवस्थानांत २०१० त हें संग्रहालय स्थापन जालें. अशे तरेचें हें गोंयांतलें पयलें खाजगी संग्रहालय आसा. तशेंच कालिका देवस्थान हें संग्रहालय स्थापन करपी पयलें गोंयांतलें देवूळ आसा.

धा विभाग आशिल्ल्या ह्या संग्रहालयांत, आदल्या काळांतल्यो (१४-१५ शेंकड्या सावन) वस्तू दवरल्यात. तातूंत फातरा – शिल्पां, पितळी दिवे (दिवल्यो, लामण दिवे आदी) चांदिचीं मुखां



तुतारी, सुर्त आनी तासो

आसात. तशेंच अठराव्या शेंकड्यांतले लाकडी किर्तीमुख, पितळी – आरती, पितळी शिल्पां, फातरी विरगळ शिल्प, फातरी रवळनाथ शिल्प आसा. ते भायर एका तेंपार वापरांत आशिल्लीं 'सूर्त', 'तासो,' 'तुतारी,' 'शींग' सारखीं वाद्यां, दोन व्हडल्यो घांटी आनी हेर सद्याक वापरांत नाशिल्ल्यो जायत्यो वस्तू थंय मांडल्यात.

– सं. मं.

कालदेरो, लॉर्ना : पळयात – लॉर्ना

कालूं (कालव) : एक प्रकारचे शिंपी – नुस्तें. दोन शिंपयां मदलें सुरक्षीत पोकळेंत ह्या प्राण्याचें मोंव अशें शरीर धांपिल्लें आसतात. ताका 'कालूं' अशें म्हणटात. हाका इंग्लिशींत 'शॅलफीश' अशें म्हणटात.

मोलुस्का (लबलबीत) संघांतल्या फाटी कणो नाशिल्ल्या प्राण्याचो एक वर्ग. ह्या वर्गांत तिसरी, खुबो, कुणय, कालूं, शिनाण्यो, म्हाणयो, म्हेनी, काली ह्या सारकिल्ल्या, शिंपयाचें कवच धारण करपी, दर्यांत तशेंच गोड्या उदकांत रावपी प्राण्यांचो आस्पाव जाता. मोलुस्का संघाच्या आनीक एका वर्गाखाल घुलो, कोंगे, सारकिल्ले शंखधारी प्राणी येतात. तांचो राबितो चडसो उथळ दर्यांतल्या दर्यादिगेच्या, न्हंयेच्या तडिच्या चिखलांत वा रेवेंत आसता. हातुंतले कांय प्राणी, लाकूड वा दोरी ह्या सारकिल्ल्या वस्तूंक दसून अधांतरी राविल्ले दिसतात. ह्यो दोन शिंपयो (करपां, म्हेनी) खोलाय आशिल्ल्या भागाकडेन भायल्यान एका विशिश्ट पदार्थान एकामेकांक जोडिल्ल्यो आसतात. अन्न वा उदक घेवपाखातीर वा हेर खंयच्याय कारणा खातीर प्राण्याक जेन्ना शिंपयो उकत्यो करच्यो पडटात तेन्ना

ह्या विशिश्ट भागाचो वापर जोड्यासारको जाता. ह्यो शिंपयो सादारणपणान तीन थरी आसतात. भायलो थर तपकिरी, पाचवो, गोबरो काळसार रंगाचो आनी शंखद्रव्यांच्या पदार्थापसून निर्माण जाल्लो आसता. हाचे पोंदचो थर कॅल्सायटच्या पदार्थापसून घडिल्लो आसता. तिसरो आनी सगळ्यांत भितल्लो थर गुळगुळीत आनी मोतयावरी चकचकीत आसता आनी तो कार्बनी पदार्थाच्या पातळ पड्ड्याचो आसता.

ह्या वर्गांतले भोवतेक प्राणी शिंपयांभितर आशिल्ल्या पांयांसारक्या अवयवाच्या आदारान एका जाग्यावयल्यान दुसऱ्या जाग्याचेर वचूंक शकतात. पूण कालूं, शिंनाणी, काली सारकिल्लीं खडपां वा हेर खंयच्याय आदाराक दसून रावपी प्राणी मात अचल आसतात. ह्या प्राण्यांक तकली नासली तरी शरिराच्या मध्यभागाचेर तोंड आसता. ह्या तोंडावरवीं स्पर्श, ज्ञान, सोद, धरप, दसप ह्यो क्रिया करप जाता. उदकावांगडा येवपी बारीक अशा अन्न कणांचेर आनी प्राणवायुचेर तांच्या शरिराचें पोशण जाता. तोंड, काळीज, पोट, गुदद्वार हे आंतररचनेवरवीं ह्या प्राण्याचें जिवितकार्य चलता.



कांय प्रकारच्या अशा प्राण्यांच्या पोटांत मोतयांची पैदास जाता. शिंपयांचेर प्रक्रिया करून चुनो तयार करतात. हो चुनो घराक काडपाखातीर वापरतात. रंगीत, सोबीत अशा शिंपयांपसून सोबेच्यो आनी संजावटिच्यो वस्तू तयार करतात जशो चावयेची की-चॅन, हारसाची फास्की, दाराक लावपाक तोरण, पड्डे आदी. शिंपयांपसून सैमीक प्रक्रियेवरवीं चुनखडपां तयार करतात.

मनशाचें अन्न म्हणून ह्या प्राण्याचो उपेग व्हड प्रमाणांत जाता. तिसऱ्यो, खुबे, कुणय, कालूं आदी हांचेपसून हुमण, मसाल्याचे तोणाक, सुकें अशे जायते जेवणाचे पदार्थ करतात. तशेंच हातूंत आशिल्ल्या मासां पसून सुकें, दांगर, पुलाव अशेंय पदार्थ करतात. हांचीं मांसा सुकोवनय तांचे पदार्थ करता.

कालूं–तिसरे वयल्यान घडिल्ल्यो कोंकणी म्हण आनी उमाणें :

१) धरकल पळोवंक नाशिल्ल्याक कालूं मेळलें. (म्हण) (कल्पने भायली व्हड वस्त मेळप)

२) हाडल्यो शंभर खाल्यो शंभर. भायर उडयल्यो दोन शंभर (उमाणें) (तिसऱ्यो) (शंभर तिसऱ्याचीं शंभर मासां खालेउप्रांत, दोनशें शिंपयो भायर उडयता.)

कालवांचे दांगर (वडे) : करपां कल्लावन काडिल्ली कालवां, कांदो, सोय, सांबार, लिंबू, मीठ, तांदळाचें पीठ वा रवो कालोवन तव्यार तळिल्ल्या पदार्थाक 'दांगर' अशें म्हणटात. चड करून हो पदार्थ जेवणावांगडा तोंडाक लायता. हे दांगर करपाची खाशेली रीत अशी आसा.

एक वाटी सोय आनी १ $\frac{१}{२}$ चमचो सांबार मातसो वांटून घेवचो. सोय मोटिशीच दवरची. करपां काल्लायल्या उपरांत कालवां काडचीं आनी धुवन घेवंचीं. १ वाटी बारीक कांदो चिरचो. हातूंत कालवां सांबार घालून वांटल्या ती सोय, लिंबू पिळून एक करची. मीठ घालचें. हातूंत उदक घालचें न्हय. पातळ दिसल्यार थोडें तांदळाचें पीठ, रवो नाजाल्यार बेसनाचें पीठ मिक्स करचें. तांदळाचें पीठ लावन तव्यार मंद गॅसाचेर तळचें. ल्हान ल्हान वांटकुळे दांगर करून आपल्याक जाय तशे दाट-पातळ करचे आनी ते बरेच भाजून घेवचे.

तिसऱ्यांचें सुकें : तिसऱ्यो, सोय, चिरिल्लो कांदो, मिरसांगेचो पिठो, हळडिचो पिठो, भिण्णांची सोलां, मीठ आनी कोथमिरेचो पालो घालून केल्ल्या पदार्थाक 'तिसऱ्यांचें सुकें' अशें म्हणटात. हो पदार्थ तयार करपाक एक खाशेली रीत आसता. ती अशी :

रीत : तिसऱ्यो कल्लावन एक शिंपी भायर उडोवंची आनी एके शिंपयेंत कालूं (तिसरेचें मास) दवरून घेवचें. उदक घेवन बऱ्योच धुवून काडच्यो. १ कुलेर (चमचो) मिरसांगेचो पिठो, १/२ कुलेर हळडिचो पिठो सोयेंत घालून, सोय वांटून घेवंची. थोडें उदक काडचें आनी कांदो, थोडें तेल घालून एका आयदनांत मात्सो तळसुचो. तातूंत वांटल्या ती सोय, तिसऱ्यो, सोलां, मीठ घालून शिजोवंची.

तिसऱ्यो बुडसर उदक घालून, तिसऱ्यो शिजतकच उदक सुकोवन चरचरावन, कोथमिरेचो पालो घालून सकयल काडचें. सुक्याक सांबार आवडटा जाल्यार सांबार घालचो, नाजाल्यार मिरसांगेचो पिठो घालचो. हें सुकें जेवतना तोंडाक, च्यायेवेळार चपातेक वा पावाक लावन खावचें.

कालवां सुकें : कल्लायिल्ल्या कालवांचीं मांसां, कांदो, हळडी पिठो, सोय, मिरसांगे पिठो, भिण्णां सोलां आनी कोथमिरे पालो घालून केल्ल्या पदार्थाक 'कालवां सुकें' म्हणटात.

साहित्य : २ मापां कालवां मासां, १ वाटी चिरिल्लो (आडवो) कांदो, १/२ चमचो हळडी पिळो, मीठ, १ वाटी सोय, १ चमचो मिरसांगे पिळो, ५-६ भिण्णां सोलां, ओली कोथमिरेचो पालो.

रीत : कालवाचीं मांसां धुवन सांबार वा मिरसांगे पिठो, हळडी पिठो सोयेंत घालून सोय वांटून काडची. सोय वांटल्या उपरांत ती धुवून थोडें उदक काडचें. एका आयदनांत एक चमचो तेल तापत दवरचें, तें तापल्या उपरांत तातूंत चिरिल्लो कांदो तळसुचो. वांटल्या ती सोय, कालवां, सोलां आनी रूची पुरतें मीठ घालून शिजोवंची. कालवां शिजतकच उदक सुकोवन, चरचरावन, कोथंमिरे पालो घालून सकयल काडचें. हेचतरेन तिसऱ्यो, खुबे आनी हेर शिंपया मासाचें सुकें करूक येता. हें सुकें करतना आवडटा जाल्यार सांबार घालचो. नाजाल्यार मिरसांगे पिठो घालचो. हें सुकें जेवतना तोंडाक लावपाक घेवचें. पाव वा चपातेवांगडाय हें लावन खावं येता.

तिसऱ्यांचो पुलाव : बासमती तांदूळ, कल्लायल्लीं तिसऱ्याचीं कालवां, नाल्ल, तेल वा तूप, कांदो, मिरयां, कांय पाकळ्यो लसूण, तिखी, सुक्यो मिरसांगो, लवंगां आनी मीठ घालून केल्ल्या जिनसाक 'पुलाव' अशें म्हणटात. हो पुलाव करपाकूय एक पद्दत आसता.

रीत : सुरवातेक २ वाट्यो बासमती तांदूळ धुवन दवरचे. १ वाटी तिसऱ्यो धुवन कालवां कल्लावन काडचीं आनी तीं धुवन काडचीं. १ नाल्ल कांतून अर्द नाल्लाचो रोस काडचो आनी उरिल्ल्या अर्द्या नाल्लाची सोय वांगडा बारीक वांटचीं. १ कांदो आनी लसूण बारीक चिरून तुपान तळसून घेवंची, तातूंत तांदूळ परतुंचे. ४ वाट्यो नाल्लाचो रोस घालचो. मीठ घालून, कुकराक तीन शिटयो जायसर शिजोवंचें. कुकर बेगिनूच उक्तो करून शीत भायर काडचें. (शीत मोव जावचे न्हय हेखातीर.)

एका आयदनांत तूप घालून कांदो उबो चिरून परतुंचो. कल्लावन घेतिल्लीं तिसऱ्यांची कालवां घालचीं. मसालो वांटून दवरला तो घालचो आनी परतुंचो. थोडेंशें उदक घालून गॅस मंद करून तिसऱ्यो शिजोवंच्यो आनी धांपून दवरच्यो. कुकरांतले शीत, तिसऱ्यो शिजतकच तातूंत घालचें. तवो तापत दवरून हो तोप तव्याचेर मंद गॅस करून दवरचो. धांपणें जडशेंच दवरचें. करपत म्हणून धवळून पळोवंचें. वाडटना कोथमिरे पालो चिरून घालचो. लिंबू पिळून चाळचें आनी वाडचें.

– सं. मं.

कालवां – दांगर (वडे) : पळयात : कालूं (कालव)

कालवां – सुकें : पळयात : कालूं (कालव)

कालिका देवस्थान : दिवचल तालुक्यांत, कासरपाल गावांत वशिल्लें दैवज्ञ ब्राह्मण समाजाचें देवस्थान. कालिकेचें देवूळ दिवचल तालुक्यांत दोन गांवांनी आसा. एक,कासरपाल गांवांत आनी दुसरें, वन गांवांत.

श्रीदेवी महामाया काळंबा, काली, महाकाली, भद्रकाली म्हणजेच श्रीदेवी कालिका देवीचें देवूळ आसून ह्या देवळाची स्थापना, काळाची तिथी, म्हयनो, शके जरी पुरावे दिवपाक अशक्य आसलें, तरी निश्चिंतपणान एक गजाल सांगू येता की, शके १३५८ श्रीनल संवत्सर चैर म्हयन्यापयलीं म्हणजे सुमार सयशें वर्सांपयलीं बरोच काळ हे श्रीकालिका देवीची मूर्त आनी तिचें देवूळ कासरपाल हांगा आशिल्लें आनी तें आशिल्ल्याचें पुरावेय आसात.

म्हापशें – गोंय हांगा एका कांसार कुटुंबाच्या घरांत, संस्कृत आनी मराठी भाशेंत मजकूर आशिल्लें तीन तांब्यापटे (ताम्रपट) आशिल्ल्याची माहिती ब्रिटीश लश्कराचे मेजर श्री. जॉर्ज ले ग्रां जाकोब (George Re Grand Jacob) हाणें इ. स. १८५० वर्सा पयली उजवाडाक हाडली. कोंकणी विद्वान इतिहास संशोधक श्री. बांबर्डेकर हाणेंय ह्या ताम्रपटांतलो मजकूर इ. स. १८५५ वर्सा प्रसिद्ध केलो.

श्रीकालिका देवी आनी कासरपाल गांव हांचो उल्लेख त्या ताम्रपटांत सापडटा. देखून त्या देवांची, देवळांची आनी कासरपाल थळाची प्राचिनता शके १३५८ वर्सापयलींची तरी निश्चीत आसा हातूंत

दुबाव ना.

श्रीकालिका देवस्थानचें ५०० वर्सां पुर्विल्ले काळाचें वास्तुशिल्प आनी पाषाणी मुर्ती आजुनूय आसा. ही मुर्ती १४ व्या ते १५ व्या शेंकड्यांती. हे मुर्तीचेर कदंब आनी थळाव्या शैलीचो प्रभाव दिसता. मुर्ती खूप पोरनीं आशिल्ल्या कारणान मुर्तीवयलें कोरीव कामाचे तपशील स्पश्ट दिसना.

सध्या देवळाच्या गर्भकुडींत मुख्यासनाचेर बसिल्ली जी श्रीकालिका देवीची मुर्ती आसा, ती मुर्ती काळ्या पाषाणाची आसून चतुर्भूज आसा. तिच्या दाव्या वयल्या हातांत त्रिशूल सकयल्या दाव्या हातांत ढाल वयल्या आनी उजव्या हातांत साळीक (कमळ) आनी सकयल्या उजव्या हातांत तलवार अशा स्वरूपांत ती मुर्ती आसा. हे मुर्तीच्या पांयाकडेन कोरिल्ले शींव आसून, ताचे सकयल मध्यभागांत तीन मायापुरुश कोरिल्ले आसात.

श्री कालिका देवीचे मुर्तीक श्रृंगार केल्याउपरांत ती सुंदर, मोहक, ाकर्शक आनी शांत दिसता. हे मुर्तीक जें मुख्यासनाचेर बसयिल्लें आसा, ते चांदिचें आसा आनी ताचेर सुंदर रितीन नक्षीकाम केल्लें आसा. मुर्ती आनी मुख्यासना भोंवतणी आशिल्लो पुराय मंडप चांदिचो आसून मुर्तीचे फाटलेवटेन चांदिचीच प्रभावळ आसा आनी त्या प्रभावळीचे नक्षीदार काम मन भुल्लुसावपी सारके आसा. मुख्यासनाचो जो चौथरो आसा ताच्या पांयाकडेन आनीक एक ल्हानशी श्रीदेवीचीच मुर्ती आसा. ती पितूळ ह्या धातुची आसा.

श्री कालिका देवीची पुराणीक माहिती आसा ती अशी :

महाभारतांतल्या उल्लेखाप्रमाण कालिका ही दक्षप्रजापतीची चली आनी कश्यप ऋषीची घरकान्न. कालिमठ हें पीठ हिमालयाच्या पर्वताचेर केदारनाथाच्या लागींच मंदाकिनी न्हंयच्या देगेर आसा. दार्याच्या तळापसून सुमार णव हजार फूट उंचायेचेर आशिल्लें भारतांतलें हें मुखेल शक्तिपीठ आसा. हांगाच्या देवळांनी महाकाली, महालक्ष्मी आनी महासरस्वतीची मुर्ती आसून देवळां खडपांच्या भागांनी आसा. ह्या जाग्यार देवांनीं तप करून महाकालिकेक प्रसन्न करून घेतली. ती सन्न जातकीर तिणें रक्तबीज दैत्यांचो नाश केलो. हांगा चैत्र ते आश्विन नवरात्रांक यात्रा भरता आनी यज्ञ कुंडार्नी स – पाद आहुतीन हवन घालतात. रक्तबीज



कारणांखातीर ह्या सुवातेक कालिमठ खंयच्या प्रकारान जातलो हें सांगून देवांक मार्गदर्शन केलें. तिचेखातीर हे सुवातेक कालिमठ हें नांव पडलां. महाकालीची मुर्ती शवारूढ आसा. कालिमठापसून दोन मैलांचेर कोटिमहेश्वरी देवीचें थळ आसा. ह्या सुवातेर यात्रीक आपल्या पितरांक पिंडदान आनी तर्पण करतात.

श्रीकालिकादेवीची जल्माची कथा आसा ती अशी :

शंबर वर्सांच्या झुजांत महिषासूर दैत्यान देवांचो पराभव केल्याउपरांत पराजित देव ब्रह्मदेवा बरोबर श्रीशंकर आनी श्रीविष्णूकडेन वचून ताणें ही खबर तांकां कळयली. ते ताका शरण गेले आनी महिषासुराच्या वधाची विनंती केली. ही खबर आयकून श्रीशंकर आनी श्रीविष्णू अस्वस्थ जाले. विष्णुच्या तोंडांतल्यान, शंकराच्या आनी हेर देवांच्या तेज वचून ते एकठांय जाले. तांचें रुपांतर एक रूपेस्त स्वरूप सुंदरीत बदल्लें. शंकराच्या तेजान तिचें मुखामळ उत्पन्न जालें. अग्नीच्या (उज्याच्या तेजान दोळे वायुच्या (वारें) तेजान कान, प्रजापतीच्या तेजान दांत, संधेच्या तेजान भुवयो, यमाच्या तेजान केंस, चंद्राच्या तेजान चंद्राप्रमाणें सुंदर गोलाकार स्तन, विष्णुच्या तेजान भुजां, इंद्राच्या तेजान शरिराचो मदलो भाग, कुबेराच्या तेजान नाक पृथ्वीच्या तेजान कुले, वरुणाच्या तेजान पोट, सुर्याच्या तेजान मांड्यो, बोटां आनी ब्रह्मदेवाच्या तेजान तळवे जाले. अशे तरेन शरिराचे हेर वेगवेगळे अवयव देवांच्या तेजापासून जाले.

उपरांत शंकरान ह्या कल्याणमय कालिका देवीक त्रिशूल दिलें. विष्णून चक्र, ब्रह्मदेवान कमंडळ (कमळ), इंद्रान वज्र, यमान दंड, प्रजापतीन स्फटिकांची माळ, वरूणान शंख आनी पाश, अग्नीन शक्ती, वायून धनुष्यबाण, सुर्यान तेज आनी काळान ढाल आनी तलवार दिली. तर हिमालयान देवीचें वाहन शींव दिलें.

श्रीकालिकेच्या इत्सेन रणभुंयेचेर हजरानीं गण निर्माण जाले. तांच्या आधारान देवीन दैत्यांचो नाश केलो. महिशासुराचे सेनापती चिक्षूर, चामर, उदग्र, कचूमर, बाष्कल, ताम्र, अंधक, उग्रवीर्य, महाहनु, बिडाल, दुर्धर, दुर्मुख, हांकां मारून उडयले. उप्रांत देवीन ताचो वध केलो. देवीच्या हातान मरण आयिल्ल्यान ताका सायुज्य मुक्ती मेळ्ळी.

कालिका म्हळ्यार काली. उग्र रुपाची श्रीकालिका देवीची मुर्ती कलकत्त्याच्या कालीघाटार, काली मंदिरांत आसा. अशी अक्राळ - विक्राळ रुपाची कालिका गोयांत येवन, गोंयच्या सैमीक वातावरणांत शांत, सौम्य जाली म्हणपाचें कासरपालच्या श्री कालिका देवीचे ध्यान पळयतकीर जाणवता. मुळची उग्रदुर्गा जशी गोयांत येवंन शांत शांतादुर्गा जाली तशी ही कालिका शांत जाली.

श्राकालिका देवीची सुंदर, मोहक, आकर्शक आनी शांत मुर्तीचें स्वरूप, देवळाची रचना, थळ, सरभोंवतणचें वातावरण, तशेंच देवळाची विशिश्ट पद्धतीन बांदिल्ली बांदकामाची रचना हें ह्या देवळाचें खाशेलेंपण आसा.

श्री कालिका देवीच्या थळांत जावपी वर्सुकी उत्सव :

दर म्हयन्याच्या शुक्ल पक्षांतल्या चतुर्दशीच्या दिसा श्रीकालिका देवीची पर्वणीची आनी उत्सवाची तिथी ह्या देवस्थानांत मनयतात. त्या प्रत्येक शुक्ल चतुर्दशीक ह्या देवस्थानांत रातच्या ९ वरांचेर शिबिकोत्सव आसता. वर्साचे बारा म्हयन्यातले बारा शुक्ल चतुर्दशीच्या दिसा रातचो शिबिकोत्सव म्हणजे पालखेंतल्यान श्रीकालिका देवीची मिरवणूक काडटात. ह्या मिरवणुकेंत थारावीक जाग्यार पालखी रावता. ताका 'पेणी' म्हणटात. पालखेची मिरवणूक जाली म्हणटकूच पालखी देवळांत परत येता. उपरांत उपस्थीत आशिल्ले सगळे महाजन मंडळी धुळ भेट घेतात.

श्रावण : म्हयनो :

ह्या म्हयन्यांतले सोमार आनी मंगळारा मागीर ते पंचांगांत चार वा पांच येवूं, ते व्हडल्या उत्सवांन मनयतात.

आश्विन म्हयनो : ह्या म्हयन्यांत शुक्ल प्रतिपदा दिसा घटस्थापना आनी नित्य नैमित्तिक धार्मीक कृत्यां सदांच शुक्ल दशमी मेरेन चालू आसतात. शुक्ल पंचमी दिसा हो महोत्सव रातचो सुरू जाता आनी तो महानमी मेरेन चलता. शुक्ल दसम दसऱ्या दिसा सीमोल्लंघनाखातीर पालखी दनपरां तीन वरांचेर भायर सरून आपट्या झाडाकडेन आवळी भोजनाचे सुवातेर मेरेन मिरवणूक काडटा. थंय चालीरितीप्रमाण धार्मीक कृत्यांची सांगता करून पालखी देवळा भोंवतणीं पेणीं करत देवळांत प्रवेश करता आनी आरती करून हो उत्सव हांगाच सोंपता.

मार्गशीर्ष म्हयनो :

ह्या म्हयन्याच्या पौर्णिमे दिसा कालो जाता. सकाळीं सदांचें भशेन कार्यक्रम जालेउपरांत श्रीकालिका देवीची पालखी श्रीदेवी भुमिका देवळामेरेन मिरवणूक काडटात. वाटेंत ह्या मिरवणुकेंत तेरा पेणीं करतात. पालखी श्रीदेवी भुमिका देवळाकडेन पावतकूच थंय धार्मीक कृत्यां करून ती पालखी परत येता आनी तिका शेजावयर बसयतात. तिचे मुखार रातिच्या वेळार नाटका जातात आनी दुसऱ्या दिसा दनपारां थंय गवळण काल्याची सांगता जायमेरेन श्रीदेवी शेजावयरूच आसता. उपरांत श्रीदेवी पालखेंत बसून गंगास्नानाकडेन वता आनी थंयच्यान परत येतकूच आरती निवेद वांटून जातकच हो कार्यक्रम सोंपता.

गवळण काल्याच्या दुसऱ्या दिसा आवळी भोजनाखातीर श्रीची पालखी दनपारां बारा वरांचेर भायर सरून आवळी भोजनाच्या सुवातेर वता. थंय आवळी पुजन, हवन, ब्राह्मण सवायशिणी संतर्पण करून रातची पालखी देवळांत येतकूच पुराण, कीर्तन, आरती, निवेद वांटप जाता आनी कार्यक्रमाची सांगता जाता.

माघ म्हयनो :

वर्धापन दिसा निमतान पालखी उत्सव, शुक्ल सप्तमी दिसा विजय रथोत्सव.

फाल्गून म्हयनो :

ह्या देवस्थानांत सगळ्यांत मोठो आनी म्हत्वाचो उत्सव म्हणजे शिगमोत्सव. हो उत्सव फाल्गुन वद्य दसमीपसून सुरू जावन फुडल्या वर्साच्या चैत्र वद्य द्वितिया मेरेन सात राती शिशिरोत्सव जाता. दसमी दिसा श्रीदेवीक हळडुव्या रंगाचे वस्त्र न्हेसयतात आनी श्रीभुमिका देवळांत परंपरेन चलत आयिल्ले पद्धतीप्रमाण धार्मीक कृत्यां करून सुंवारी वादन जाता आनी श्रीगणपतीं देवाक आवाहन करतात. अमाशेच्या दिसा म्हणजे सव्या दिसा उत्सव करपी कारभारी महाजन, तेचबरोबर सुंवारी वाजोवपी, हिमालत घेतिल्ले आनी हेर सगळे कुटुंबावांगडा, तळयेर भिंवरी व्हरून थंय गंगापुजन करतात.

भिंवरी :

गोंयांत फक्त ह्याच देवळांत भिंवरी हो उत्सव मनयतना पळोवंक मेळटा. हो उत्सव खूब आदल्या काळापासून मनयत आयिल्लो आसा.

भिंवरीची मिरवणूक काडटात. फाल्गुन वद्य दसमीपसून सातव्या दिसा श्रीमहादेवी प्रीत्यर्थ ब्राह्मण सवायशिणी संतर्पण करून रातचे फल वाचन, पंचांग श्रवण, सुंवारी वादन, दीपस्तंभाकडेन पालखेची पुजा जाल्या उपरांत देवीक पालखेंतल्यान लालखी वाहनांत बसयतात. आनी ती लालखी मिरवणुकेन वाटेर पेणी करत श्रीभुमिका देवळामेरेन व्हरता.

थंय धार्मीक विधी जातकूच ती लालखी येतना, देवळामुखार रावता. लालखेंतल्यान देवोवन श्रीदेवी पालखेंत बसून देवळांत येता.

आठव्या दिसा श्रीकालिका देवी गुडयांच्या रथांत बसून श्रीभुमिका देवळामेरेन वता आनी थंयच्यान भोंवून परत तो रथ देवळाच्या सोंपणांकडेन हाडून दवरता, थंय गाराणें घालता आनी अर्चक देवीक गुलाल लायता. उपरांत थंय उपस्थीत आशिल्ले महाजन धुळभेट घेवून, देवीचेर गुलाल समर्पण करून जाल्याउपरांत नाल्ल फोडटात. उपरांत सगळे भावीक एकामेकांक गुलाल लायतात. त्या दिसा राती निमाणो दीस आशिल्ल्यान सांजेवेळार महाजन देवीची पुजा करून, आरती, निवेद वांटप, कलवतांचे गांवप, नाच जातकूच ह्या उत्सवाची सांगता जाता. ह्या शिगम्या उत्सवाक शिशिरोत्सव ह्या नांवान हालिंच्या काळांत वळखतात. ह्या शिशिरोत्सवांत फाल्गून वद्य द्वादशी, त्रयोदशी, चतुर्दशी आनी अमास ह्या चारूय दिसा रातचे श्रीकालिका देवीची पालखेंतल्यान मिरवणूक काडून आनी चैत्र शुक्ल प्रतिपदा दिसा हो शिबिकोत्सव जाता. तेभायर ह्या त्रयोदशी, चतुर्दशी, अमास, तशेंच चैत्र शुक्ल प्रतिपदा दिसा रातचीं नाटकां नासतात. देवस्थानांत होच उत्सव मोठो आनी महत्वाचो मानतात.

प्रसाद – कौल :

गोंयच्या हेर देवळां सारकेंच ह्याय देवळांत प्रसाद कौल घेवपाची पद्धत आसा. श्रीकालिका देवीची पाशाणी मुर्ती गर्भकुडींत मुख्यासनाचेर जी प्रतिश्ठित आसा, त्या मुख्यासनाच्या सकयल जमनीतळाक आनीक एक दुसरी मुर्ती स्थापन केल्या. हे मुर्तीक प्राद लावन कौल घेतात. ही मुर्ती आकारान ल्हान आसून तिका एक प्रभावळ आसा. दनपरां महानिवेद जातकूच महापुजा जाल्याउपरांत अर्चक भट प्रसाद लायता. हो प्रसाद सुर्यास्त जायमेरेन लायतात. ह्या देवस्थानांत दर म्हयन्याच्या शुक्ल आनी कृष्ण (वद्य) पक्षांतली एकादस, अमास आनी उत्सवा दिसा प्रसाद जायनात.

ह्या देवस्थानाचें एक खाशेलें कार्य म्हणजे, देवस्थानाच्या कार्यकारी मंडळान २०१० त उबारिल्लें कालंबा संग्रहालय. देवळासंबंधीत वस्तुंचो संग्रह आशिल्लें हें अशेतरेचें गोंयांतलें पयलें खाजगी संग्रहालय आसा.

– सं. मं.

कालेलकार, काकासाहेब : (जल्म : १ डिसेंबर १८८५, सातारा – महाराश्ट्र, मरण : २१ ऑगस्ट १९८१, नवी दिल्ली)

नामनेचो गांधीवादी, गुजराती साहित्यीक आनी शिक्षणतज्ञ. ताचें पुराय नांव दत्तात्रेय बाळकृष्ण कालेलकर. पूण काका कालेलकार ह्या नांवांनूच लोक ताका चड वळखतात. बेळगांव वाठारालागसार आशिल्लो बेळगुंदी हो ताचो मूळ गांव. १९०७ वर्सा पुण्याच्या फर्ग्युसन कॉलेजींत ताणें बी. ए. ची पदवी घेतली. उपरांत तो कायद्याचें शिक्षण घेवंक लागलो. एल्. एल. बी. च्या दुसऱ्या वर्साक आसतना तो राश्ट्रकार्यांत सरलो. १९०९, वर्सा सांवन तो मुंबयच्या 'राष्ट्रमत' दिसाळ्यांत काम करूंक लागलो. १९१२ वर्सा ताणें हिमालयाची यात्रा केली. १९१५ वर्सा ताची शांतिनिकेतन हांगा महात्मा गांधीलागीं भेट जाली आनी तेन्नाच्यान तो गांधीजीचो अनुयायी जालो. १९१७ वर्सा तो गांधीजीच्या साबरमती आश्रमांत रावंक गेलो.

१९२० वर्सा सांवन ताणें गुरजरातींत बरोवंक सुरवात केली. १९२८ वर्सा गुजरात विद्यापीठाचो तो कुलगुरु जालो. ह्याच काळांत १९१९ वर्सा ताणें गुजराती भाशेचो पयलो अधिकृत शब्दकोश 'जोडणी कोश' तयार करून म्हत्वाचें कार्य केलें. १९३७ वर्सा तो वर्धा वाठारांत आशिल्ल्या 'सेवाग्रामांत' रावपाक गेलो. १९४८ वर्सा तो दिल्ली शारांत रावपाक गेलो. भारताच्या स्वतंत्रताय चळवळींत वांटो घेवन ताणें जायते फावट बंदखण भोगल्या. १९५७ वर्सा मुंबय शारांत जाल्ले, अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य परिशदेच्या सव्या अधिवेशनाचो काकासाहेब उद्घाटक आशिल्लो. त्या वेळार भाशण करतना काकासाहेबान सांगलें की, 'कोंकणी ही स्वतंत्र भास आसा आनी गोंय स्वतंत्र जातकच गोंय – गोंयची राजभास कोंकणी आसूंक जाय.'



काकासाहेब कालेलकारान भारताची राष्ट्रभाषा हिंदी आनी हिंदुस्थानीचो प्रचार, राष्ट्रीय शिक्षणाची उदरगत आनी सगळ्या धर्मसमन्वयाचो प्रचार अशीं तीन म्हत्वाचीं कामां केलीं. हे पासत ताणें सगळ्या भारतांत आनी उपरांत पुराय संवसारांत भोंवडी केली. हे भोंवडेचीं वर्णनां ताणें सुंदरतरेन गुजराती भाशेंत बरयल्यात. तातुंतलीं कांय पुस्तकां अशीं आसात. 'हिमालयनो प्रवास' – १९२४, 'ब्रह्मदेशनो प्रवास' – १९३१, 'पूर्व अफ्रीकामां' – १९५१, 'उगमणो देश : जापान' १९५८ ह्या पुस्तकां वांगडा ताणें बरयल्ल्या 'स्मरणयात्रा आनी लोकमाता' – १९३४, 'जीवननो आनंद' – १९३६ ह्या ललित ग्रंथांक खूब नामना मेळ्ळ्या. ताची काव्यमय प्रसन्न शैली, जिणेचें सार केळयल्ली विचारसरणी आनी खोल चिंतन हांचे खातीर ताच्या साहित्याक सासणाचें स्वरूप प्राप्त जालां. 'हिंडलग्याचा प्रसाद' (१९३४), 'वनशोभा' (१९४४), 'खेळकर पाने' (१९६४), अशीं कांय मराठी पुस्तकां ताणें बरयल्यात. 'पुण्यभूमि गोमंतक' (१९५८) ह्या मराठी निबंध संग्रहांत ताणें गोंयां संबंधी प्रस्नांची चर्चा केल्या. तेचपरी ताच्या गुजराती साहित्यांतलें कांय साहित्य मराठी भाशेंत अणकारलां. हिंदी आनी इंग्लीश भाशेंतूय ताचें कांय ग्रंथ बरयल्ले आसात.

१९५२ आनी १९५८ वर्सा ताची राष्ट्रपतीचे वतीन राज्यसभेचेर नेमणूक जाली. १९५३ वर्सा अनुसूचीत जमातींच्या आयोगाचो ताका अध्यक्ष नेमलो. १९५९ वर्सा अहमदाबाद हांगासर भरिल्ल्या गुजराती साहित्य परिशदेच्या अधिवेशनाचो तो अध्यक्ष आशिल्लो. १९६० वर्सा केंद्रीय सरकारान थापणूक केल्या हिंदी विश्वकोशाचो सदस्य म्हूण ताका वेंचून काडलो. १९६४ वर्सा ताका 'पद्मविभूषण' ही पदवी मेळ्ळी. १९६६ वर्सा ताच्या 'जीवनव्यवस्था' ह्या निबंधसंग्रहाक साहित्य अकादेमीचें इनाम फाव जाल्लें. १३ जुलय १९७२ दिसा ताका साहित्य अकादेमीची 'फेलोशिप' दिवन ताचो भोवमान केला. एक व्हड विचारवंत आनी जायत्या भासांचो जाणकार म्हूण लोक ताका वळखतात.

गोंयचे नामनेचे विचारवंत आनी लेखक रवींद्र केळेकार हाका काकासायब कालेलकाराचो बरोच सहवास गांधी आश्रमांत एकठांय रावताना मेळ्ळो. ताच्या सहवासांत आसताना रवीन्द्र केळेकाराक, ताचें

जडण–घडणेंत वैयक्तीक लाब जालोच. तेच वांगडा कोंकणी भास आनी गोंय प्रदेश हांच्या फुडाराचो प्रस्न राश्ट्रीय पावंड्यार वेवस्थीत मांडपाक तांचें एकठांय योवप फायद्याचें जालें.

– सं. मं.

कालो : कोंकणांतलो एक पुर्विल्लो लोकनाट्य प्रकार. कोंकणांतल्या भोवतेक सार्वजनीक धार्मीक उत्सवावेळार, देवळामुखार वा देवळाच्या प्राकारांत हो लोकनाट्य अविश्कार जाता. आधुनीक नाटक उबें रावचें पयलीं, सामक्या साद्या रितीन (व्हडलिशी माची वा नेपथ्य घेनासताना) सादर जावपी कालो हें लोकनाट्य गांवांनी लोकप्रीय आसलें. गांवच्या लोकांखातीर तें मनोरंजन आनी प्रबोधनाचें एक आकर्शण आसलें. काल्यांतलें संगीत, पोशाख, आनी तातुंतलीं अमानवी पात्रांक लागून कालो चड ओड लायणो जातालो. जशे सगळ्याच लोक कला प्रकारांक (नाच – गायन – वादन) धार्मीक अधिष्ठान मेळिल्लें तशें कालो हो कलाप्रकार थळाव्या देवाच्या उत्सवाचो एक धार्मीक विधी म्हणून सादर करप जातालो. म्हणून, आयजय, थळाव्या धार्मीक उत्सवांनी आधुनीक पुराय विकसीत जाल्लो नाट्यप्रयोग सादर करप जाता आसलो, तरी धार्मीक संदर्भांतल्यान आधुनीक नाट्यप्रयोगा पयलीं, भोगावळिच्या रुपांत तरी, कालो सादर करपाची परंपरा खुपशा देवळांनी आजय चलता.

'संकासूर कालो,' 'रातकालो', 'दशावतारी कालो,' 'बाळक्रिडा कालो', 'धंयकालो, 'गवळणकालो, गोपाळकालो आनी चिखलकालो हे काल्याचे कांय म्हत्वाचे प्रकार आसात.

दशावतारी कालो : एकाद्र्या देवळासामकार

गणपती आनी रिद्धी – सिद्धी नाच

चिखल कालो

वा सभामंडपांत पुराय रातभर दिवल्यो आनी दिवट्यो पेटोवन, शास्त्रशुद्ध ताललयिचेर ध्रुपद धमाराचे बोल घुमोवपी हो मुखेल आद्य लोकनाट्यप्रकार आसा. ह्या काल्याच्या मुखेल वाट्यांत दशावतारांतलें कथानक सादर करता आसल्यान हाका 'दशावतारी कालो' हें नांव पडलां.

कार्तिक ते फाल्गून म्हयन्या मेरेन खंयच्याय दिसा चडशा देवळांत कालो जाता. दशावतारी कालो हो देवळाच्या उत्सवाचो एक वांटो आशिल्ल्यान चडसो तो देवळा फुडले मेकळे सुवातेंत सादर करतात. फाटल्यान फकत एकूच धवो पड्डो आसता, ह्या धव्या पड्ड्या फाटल्यानसून सवंगां येतात आनी पड्ड्या फुडल्यान नाचून वतात. पड्ड्या फुडल्यान एके कुशीक हरदास आनी वादक बसतात. दशावतारी काल्याचें मूळ कर्नाटकाच्या यक्षगानांत आसा अशें कांय जाणांचें मत आसा. कांय जाणांक हें मत मान्य ना. हेर लोक नाट्याप्रमाण दशावतारी नाटकाचो मूळ गाभो थळावो आनी हेर प्रांतांतल्या लोकवेदाचो ताचेर प्रभाव पडला आसूंये. कालो सादर करपी खास कालेकार (पथक) आसता. कांयकडेन गांवचेच लोक परंपरा राखपाखातीर हो काल्याचो उत्सव मनयतात. गणपती, सरस्वती, ऋद्धि-सिद्धी, आनी एकाद्रें पुराण हें काल्याचें मुखेल सूत्र कायम आसता. काल्याची सादारण पद्धत अशी आसता :

सुर्वेक हरदास वा सुत्रधार आंगभर धवो झगो, माथ्याक पगडी, कपलाक उबें गंध, हातांत झांज अशा भेसान मिरवणुकींत देवळांत येता. ताच्या वांगडा तालवादक, गायक आनी दोन मृदंगी आसतात.

पयलींच्या काळांत हरदासूय 'नाच' करतालो. ताका 'भोंवर' म्हणटाले. आतां हरदासालें मंगलाचरण घटके भितर सोंपता. मंगलाचरण सोंपतकच दोनय मृदंगांचे सवाल जबाब करीत सुमार अर्दवर एके लयींत वादन चलतां. भट येतकच मृदंग खिणापुरतें थांबता. 'श्रीमन्महा गणाधिपतये नमः' अशा गजरांत ऋद्धि-सिद्धीसयत रुपडें घाल्लो गणपती येता आनी नाचता. गणपतीचो हात सोडून ऋद्धि-सिद्धी कांय फावट मुखार येवन नाचतात. गणपतीची पुजा करचे आदीं भट आनी हरदास वा सुत्रधारामदीं अर्दवर सुमार शाब्दीक जुगलबंदी चलता. विडंबनात्मक आनी अश्लील उतरांची तातूंत खूब भरसण आसता. जुगलबंदी सोंपतकच गणपतीची पुजा जाता. भट गणपतीक गाराणें घालता आनी उत्सव बरे भशेन जावचो म्हूण आळयता. ताचे फाटल्यान सरस्वती येवन नाचता. ती नाचून वतकच एकाद्रेवेळ हरदासालें पुराण जाता. निमाणो संकासूर येता. ताचेवांगडा चिमा, पोकळा हे वांगडी आसतात. हे सगळे माचयेर येवन धुमशेणां कांडटात, बोवाळ करतात आनी नाचतात. माचयेर संकासूर आनी हरदासाभितर अश्लील उतरांची पूर्ण गर्भीत अर्थाची जुगलबंदी चलता. तातूंत दिसपट्टे जिणेंत घडपी घडणुकांचेर उपरोधीक शैलिंतल्यान विडंबन केल्लें आसता. माचयेर गोंदोळ करपी संकासुराचेर, ब्रह्मदेवाले वेद चोरून व्हेल्यात असो आरोप आसता, संकासूर गुन्यांव मानपाक तयार जायना. तेन्ना मत्स्यावतारांतलो भगवान विष्णु ताका झुजाक पाचारता. ह्या झुजांत विष्णु संकासुराक जिवेशीं मारता. हांगा काल्याचो पयलो वांटो सोंपता. ह्या संकासुराच्या पात्रावयल्यान काल्याक संकासूर - कालो हें नांव पडलां.

दुसऱ्या वांट्यांत धा अवतारांमदल्या खंयच्याय एका अवताराचेर आदारीत कथानक घेवन नृत्य,



चिखल उपचार पद्दत (थेरपी)

संगीत आनी संवाद ह्या तीन माध्यमावरवीं संगीत नाटकाच्या रुपान लोकांसामकार सादर करतात. आदल्या काळांत धाय अवतारांतलें कथानक सादर करताले. सद्या एक-दोन अवतारांचेर भागयतात. दशावतारी काल्याचें लिखीत अशें कथानक नासता. सवंगी कथानकाक फाव ते संवाद, भाशण आनी गीतां म्हणटा आनी ताका पुरक अभिनय करता. ह्या काल्यांतलें संगीत आनी झुंजाप्रसंग खुपूच ओड लायणे आसता.

गवळणकालो : कृष्णकथेच्या आदारान सादर केल्ल्या नृत्यनाटकाक 'गवळणकालो' म्हणटात. हातूंत मुखेलपणान कृष्ण आनी गौळणीचेर आधारीत सादरीकरण जाता जाल्ल्यान हाका गौळण कालो म्हणटात. कोंकणांत खास करून दक्षीण रत्नागिरींत 'धंयकालो' म्हूण ह्या काल्याची नामना आसा.

थंयच्यान तो 'पेडण्यांत' पावलो. सादारणपणान दशावतारी काल्याच्या दुसऱ्या दिसा दनपरां 'गौळणकालो' मनयतात. गौळणकाल्याखातीर खास अशी रंगमाची नासता. कालो जावपाचे सुवातीर दोन पेटयिल्ल्यो दिवल्यो दवरिल्ल्यो आसतात. थंय हो कालो जाता. हरदास, कृष्ण, यशोदा, राधा, गोपी, पेंदो आनी ताचे वांगडी हीं गौळणकाल्यांतलीं मुखेल सवंगां. पयलीं संगिताची साथ दिवपाक मृदंग, सारंगी आसताली. आतां तबलें, पेटी आसता.

थारायिल्ल्या वेळार गौळणकाल्यांतलीं सवंगां लोकांमदल्यान वाट काडीत थरावीक सुवातेर येतात आनी काल्याक सुरवात जाता. सुर्वेक हरदास सदांचे पद्धतीन काल्याक सुरवात करता. ताचे फाटल्यान गोपालकृष्ण येता. उपरांत गोपी आनी हेर वांगडी येतात. हे सगळे नाचपाक – गावपाक सुरवात करतात. हातूंत हरदास कुशीक उरता पूण कथेक रंग चडटा. कथेंतलीं पात्रां वीस वर्सां सकयलीं आसतात. राधा मात कृष्णांपरस व्हड आसता. गौळणकाल्यांत नाट्यगीत, खानदानी, शास्त्रीय संगीत, हरदासाले अभंग, साकी, दिंडी, लावणी, गोपिकांची संघगीतां, राधाकृष्णालीं द्वंद्वगीतां, कृष्णपेंद्यालीं संवाद गीतां, कृष्णाच्या वांगड्यालीं लुडबीं बडबडगीतां हांचो सोबीत मेळ जाता. काल्याचे धंयाच्यो हांडयो फोडटात म्हणून हाका धंय कालो अशेय म्हणटात. सद्या हे सगळे विधी नांवापुरते 'भोगावळ' म्हूण जातात. हरदास आपल्या आख्यानांतच सगळें सांगता आनी कालो सोंपता. गौळणकाल्यांतलो नृत्यप्रकार 'रासगरबा' पद्धतींत येता. आर्विल्लें सिनेमा संगीत, कथ्थक, भरतनाट्यम् आनी मणिपुरी नृत्य हातुंतल्यान जायत्यो बऱ्यो गजाली गौळणकाल्यांत घेतल्यात.

गोपाळकालो : दशावतारा उपरांत, फांतोडेर हो कालो मनयतात. गोपाळकालो करूंक जमिल्ले लोक



टॉमेटो उत्सव (स्पेन)

दोन पंगड करून उबे रावतात. मृदंगाच्या तालार गणपतीस्तवन जाता. जमिल्ल्या लोकांमदलो एकाद्रो जाणटो सुत्रसंचालन करता. श्लोक, होंवयो, पदां ह्या माध्यमांतल्यान काल्याच्या गायनाक सुरवात जाता. गोपाळकाल्याची काणी अशी आसता – णव लाख गोपाळ दोन वांटे करून खेळ खेळटात. त्यावेळार कंसाचो भाव प्रतलंभासुर गोपाळाच्या भेसांत तांचेमदीं भरसता. श्रीकृष्ण ताका वळखता आनी ताचे वांगडा विंगडविंगड खेळ करून ताका हरयता. सद्या लोकांच्या दोन पंगडांतल्या एका पंगडांतल्यान कृष्ण, बलराम आनी दुसऱ्या पंगडांतल्यान प्रलंभासूर एकामेकांसामकार येतात. दोनूय वटेन एकामेकांक कूट (गूढ) प्रस्न विचारून हरोवपाचो यत्न जाता. भरताच्या नाट्य शास्त्रांतल्या उल्लेखांप्रमाण हें चलता. हे कूट प्रस्न आनी तांची जाप गावन, वाजोवन आनी नाचून सादर करतात. तें सोंपतकच प्रलंभासूर बलरामाक खांद्यार उखलून घेवन पळटा. बलराम प्रलंभासूराचे तकलेर मूठ मारून ताका जिवेशीं मारता. निमणे धंयाचे हांडे फोडून गोपाळकालो सोंपता. गोपाळकाल्यांतली कूट प्रस्नाची भास 'प्राकृत' आसता. ताचेर कोंकणी आनी मराठी भाशेचो प्रभाव पडिल्लो दिसता. खेळांतले कूट प्रस्न आनी जापो रचपी अशिक्षीत आसले, तरी तांचो पांवडो उंचेल्या साहित्याच्या तोलामोलाचो आसता.

गोपाळ काल्यांतले कांय कूट प्रस्न अशे आसातः

नाडी झिजली कधी वाढली
त्याच्या गळ्यांत लावली दोरी
हात लायल्यार बोबाट मारी रे
कानोबा सांगपा त्याचे नांव
जाप : घुमट
भांडयो तुरूतुरू करतालो
सिंयोर तिचे भोंवती भोंवतालो
तांबडे घालून धवें काडितालो रे
कानोबा सांगपा त्याचे नांव
जाप – दातें

तशेंच गोकुळाष्टमीक जावपी धंय – हंडी काल्याकय गोपाळकालो म्हणटात. ह्या काल्यांत धंयान भरिल्ली हंडी उंचायेर बांदतात. काल्यांत वांटो घेवपी पिरामिडाच्या आकारासारखे एकमेकांच्या खांदार उबे रावून मानवी कोंडाळीं करतात. म्हणजे सगळ्यांत सकयल चड आनी वयर वयर उणे लोक जायत रावता. एकलो सगळ्यांत वयल्या कोंडाळ्याच्या खांदार उबो रावन धंय–हंडी फोडटा. ह्या कार्यावळीक 'गोविन्दा' अशेंय म्हणटात. हालिंच्या काळांत अशा धंय – हंडिच्यो सर्ती जाता आनी तांकां व्हडा प्रमाणांत लोक उपस्थिती लायता. हालिंसरां चल्यांसारख्योच चलयोय आपले पंगड करून ह्या सर्तिंनी वांटो घेतात. हो कालो कृष्णाच्या जल्माच्या सुवाळ्याक धरून जाता आशिल्ल्यान, धंय हंडी फोडप हें कृष्णाच्या भुरग्यापणांतले धंय – हंडी फोडपाचे लिलेकडेन ताचो संबंध लागता. कृष्ण ल्हानपणी गोकुळांत रावतना आपल्या सवंगड्यांच्या (गोपालांच्या) फाटीर उबो रावून वयर शिक्यांर दवरिल्लीं धंय–हंडी फोडून तातुंतलें धंय खातालो. ताची याद करपाक आता धंय–हंडी ही कार्यावळ करतात.

चिखल कालो : आशाढ म्हयन्यांतल्या उटंगारांच्या पावसांत सगळेकडेन कोंडां आनी चिखल जाल्लो आसता. ह्या भर पावसांत सांजवेळच्या वेळार सगळे जाण्टे – नेण्टे, देवळाकडेन जमून रेबट

करतात. धोलक्याच्या ठेक्यार रेब्यांत नाचतात आनी एकामेकांचेर चिखल उसळायत, वेगवेगळीं नाडपेन्नां आनी खेळ खेळटात. हाकाच 'चिखल कालो' अशें म्हणटात. माशेल, सांखळे, सांगें ह्या गांवांनी गोंयांत अजुनूय चिखल कालो जातात. सांग्यार चिखल कालो आशाढांतले शुद्ध द्वादशीक जाता.

ह्या चिखल काल्याच्या चिखलांत खेळ खेळून वर्साच्यो भोगावळी म्हूण करतात. हातुंतल्यो कांय भोगावळीं अशो आसात : १) प्रसाद घेवप, २) वाग आनी बोकडां ३) दातें ४) मल्लखांब.

१) प्रसाद घेवप : सुरवातीक एक रेग घालतात. एक मनीस हातांत प्रसादा फुलां वा तुळशीची माळ घेवन लांब उडी मारता. ताचें पांय ज्या जाग्यार पडटात थंय दुसरे ताचीं पावलां दामून धरतात. मागीर तो दोनय हात जमनीक लावन, जाता तितली पयस उडी मारता. उपरांत साश्टांग न्हिदून हात पावता थंय प्रसाद दवरता. मागीर एका फाटल्यान एक गडे तशेच पद्धतीन प्रसाद फुडें चलयतात. जो गडो सगळ्यांत पयस प्रसाद पावयता, ताका सगळे खोशयेन घेवन नाचतात.

२) वाग आनी बोकडां : दोग जाण राखणे जावन हातांतले सोटे वावडीत बोकडां राखतात. कांय भुरगीं बोकडां जातात आनी राखण्यांच्या पांयांक घट धरून 'बें बें' करीत रावतात. दोग जाण वाग जातात आनी राखण्याची नदर आनी सोटो चुकोवन एक एक बोकड ओडून काडटात. अशेतरेन सगळीं बोकडां सोंपयतात.

३) दातें : चोग – पांच जाण, पांयांक पांय लावन आनी हातांत हात गुंथून वांटकुळेच बसतात. दुसरे दोग जाण मदीं बसून बशिल्ल्यांच्या पांयांचे आंगठे हातांनी घट धरतात. मागीर सगळे जाण खोंटांचेर पेज दिवन दात्यावरी वांटकुळेच घुंवतात. घुंवतना सगळे जाण 'भल भलभले' अशें म्हणटात. एकाच वेळार कितलींय दातीं घुंवतात.

४) मल्लखांब : मल्लखांबाखातीर भुरग्यांच्यो कांय जोडयो करतात. ह्यो जोड्यो एकामेकांच्या खांद्यार उब्यो रावन एक खांब तयार करतात. सगळ्यांत माथ्यार एकटोच रावता. मल्लखांब चडांत चड ऊंच करपाचो यत्न करतात. तशेंच मल्लखांब्याच्या माथ्यार वयर चडटल्या भुरग्यांकय खूब नामनां मेळटा.

हेभायर लागोण्यांनी, आपालिपा, खो-खो, घाडी, भार, देंवचार, मोर, घोण अशे कितलेशेच तरेचे खेळ खेळटात.

हालिंच्या काळांत, बिस्कुत्यो, चॉकलेटी, केळीं, लाडू हाडून ते वयलेवयर जिकून घेवपाचीय मजा करतात.

सदारण तीन वरां तरी अशे तरेच्यो भोगावळी चलतात. उपरांत नाचत गायत न्हंयचेर वतात. सादारणपणान ह्या वेळार न्हंयक हुंवार आयिल्लो आसता, तरी लेगीत न्हंयच्या हुंवाराच्या तांबड्या उदकांत गडे पेंवतात. एकामेकांचेर उदक शेंवटून मजा करतात. मागीर न्हांवन – धुंवन अनवाळ्यांनी परत देवळांत वतात. देवळांत आरती, पुजा करून प्रसाद वांटप जाता.

मड फेस्टीवल : दक्षीण कोरियांत वर्सुकी चिखल – उत्सव (मड फेस्टीवल) मनयतात. हातूंत दादले तशे बायलोय वांटो घेतात. मड फेस्टिवलांत चिखल काल्यासारखेच मड बॉक्सींग, मड स्लायडींग अशे चिखलांतले खेळ खेळटात. हांगा अशा खेळांच्यो सर्तीय जाता. विशेश म्हणजे ह्या चिखल उत्सवांत 'मड कींग' आनी 'मड क्वीन' वेंचून काडटात.

माती ही निर्मिती क्षमता आशिल्ली वस्त. हे मातयेंत जिवनदायी गुणधर्म आसात. तशेंच तातूंत भलायकेक पुरक अशे घटक आसात हें शास्त्रीय नदरेन सिद्ध जाल्लें आसा. जशें कांय कडच्या उदकांत वैजकी गुणधर्म आशिल्ले घटक आसता. अशेच घटक मातयेंतय आसता. अशे मातयेचो लेप मनशाचे कातीक काडलो, तर ती आधुनीक वैजकी शास्त्रांतली एके तरेची थेरपी सारखी ती एक उपचार पद्दत जाता. चिखल काल्यांतलें चिखलांत भरिल्लें आंग ही अशेच तरेची मड थेरपिची (चिखल उपचाराची) पद्दत आसूं येता. आदल्या काळांतले चालीप्रमाण सगळेच उपक्रम हे धार्मीक स्वरूपाचे आसताले जाल्ल्यान ही चिखल उपचार पद्दत चिखल काल्याच्या माध्यमावरवीं जाताली आसूं येता.

संसारांतल्या कांय थारावीक वाठारांतल्या, खाशेलो वैजकी गुणधर्म आशिल्ल्या, चिखलाचो लेप आंगभर काडपाची पद्दत जायत्या पश्चिमी देशांतय चलता. रशियेच्या खाकासिया प्रदेशांतल्या, खाऱ्या उदकाच्या तूस तळ्यांतल्या काळया चिखलाक असोच वैजकी गुणधर्म आशिल्ल्यान तो थंयचे लोक आंगाक सारयतात.

चिखल काल्या सारकोच, पूण टोमाटांच्या गरांत खेळपाचो 'टोमाटिना फियेस्ता' (टोमाटां – उत्सव) आगश्ट म्हयन्यांत स्पेनांतल्या बुनोल वाठारांत मनयता. ह्या उत्सवांत टनानीं टोमाटांचो गिरोपाची रास करता आनी तातूंत आंगभर बुडून लोक वेगवेगळ्यो कसरती करतात. ह्या उत्सवा फाटल्यानय मनोरंजना वांगडा कातिच्यो पिडा पयस करपी वैजकी – उपचार (टोमाटां पल्प थेरपी) आसता अशें मानतात.

– सं. मं.

कावड : आदल्या काळांतली येरादारिची एक वेवस्था. कोंड्याची एक घट्ट अशी सुमार जाडयेची एक बडी. तिच्या दोनय तोंकाकडेन प्रत्येकी चार दोरयो वा बारीक कोंड्याबड्यो बांदून, तांच्या दुसऱ्या तोंकाकडेन केल्ली एक बसका, अशें तिचें स्वरुप आसतालें. ह्यां दोनय बसकांचेर सम–समान वजनाचे जिन्नस (धान्य, उदक, फळा, लाकडां, आदी) दवरून कावडिची बडी मनशाच्या खांदार दवरून जिन्नसांचें हाड – व्हरप जातालें. कांय वेळार

मनशांक (विशेश करून पिडेकार, अपंगूळ, भुरगीं) हाड व्हरपाचें काम कावडिंतल्यान जातालें. दोनय बसकांचेर सम–समान वजन आसप आनी कावडिचो मध्यभाग मनशाच्या खांदार उरप हातुंतल्यान कावड खांदार घेवन चलतल्याक खांदावयल्या वजनाचो तोल सांबाळपाक बरें पडटालें.

रामायणांत अशे कावडिचो उल्लेख श्रावण बाळाचे कथेंत आयला.

श्रावण आपल्या म्हाताऱ्या – अचकूल आवय बापायक कावडींत बसोवन, ती कावड आपल्या खांदार घेवन तिर्थयात्रेक वता.

कावड-उत्सव नावाचो एक धार्मीक उत्सव भारतातं तसो भारताभायर मलेशिया, थायलँड सारख्या प्रदेशानी प्रचलीत आसा. ह्या उत्सवांत भावीक लोक खांदार कावड घेवन मिरवणुकेंतल्यान देवळासरभोवतणी प्रदिक्षणा काडटात. कावड ह्या उतराचो अर्थ दर पावलाक त्यागं हे भावनेन हो उत्सव मनयतात. दक्षीण अशियेच्या प्रदेशानी 'थाई पुसम' ह्या शीव पूत सुब्रह्मण्य देवाच्या नावान मनयल्ल्या उत्सवांत कावडीची मिरवणूक काडटात. भारतांत श्रावणांत वैद्यनाथ धामांत शिवलिंगाचेर अभिशेक करूंक शिवभक्त खांदार कावड घेवन तातूंत उदक घालून ताचो शिवलिंगार अभिशेक करता. असो अभिशेक करतकीर पुण्य प्राप्त जाता असो भावार्थ आसा. विशेश म्हणजे ह्यो कावडी करपाचें काम, उत्तर प्रदेशांतल्या मेरठ जिल्ल्यांतले मुसलमान लोक करतात.

आधुनीक वाहनांचेर सोयीक लागून आतां कावडिची गरज उरूंक ना. तरीय जंय आधुनीक वाहनांची सोय शक्य नासता, अशा दोंगरी वाठारांनी आजय कावडिचो वापर जाल्लो दिसता.

– सं. मं.

कावळो : गण : प्यासेरिफार्मिस, कुटुंब : कार्विडी (काक). मनशाच्या सहवासांत येवन राविल्लो एक पक्षी. हो काक (कार्व्हिडी) कुळांतलो, कार्वस जातिचो पक्षी आसा. कावळ्याच्यो सुमार ३२ जाती आसून संवसारांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांत ते दिश्टी पडटात. दक्षीण अमेरिकेंत मात कावळो दिसून येना. भारतांत कावळ्याच्यो दोन जाती दिश्टी पडटात. एक, 'घरकावळो' आनी दुसरो, 'डोरकावळो' वा 'रानकावळो'. घरकावळ्याचे शास्त्रीय नांव 'कार्व्हस स्प्लेंडेन्स' आनी रानकावळ्याचें शास्त्रीय नांव 'कोर्व्हस मॅक्रोन्हिंकस.'

घरकावळो मध्यम आकाराचो आसून ताची लांबाय सुमार ४६ सेंमी. आसता. ताचो पुराय देह काळो आसता आनी तातूंत निळ्या, जांबळ्या आनी पाचव्या रंगाची सया आसता. ताचें माने भोंवतणी गोबराकोराचो रुंद पटो आसता. संसारांत सामके दुर्मीळ अशे अवघेच धव्या रंगाचे कावळे आसात. गोंयांत अशे एक दोन धवे कावळे (albimo) एप्रील २०१० त पेडणे गांवांत मेळिल्ले. तांकां बोंडला अभयरण्यांत दवरल्या. ताची चोंच फुडल्या तोंकार मात्सी बावगल्ली आनी बरीच घट्ट आशिल्ल्यान ती ताका भक्ष्य धरपाक उपेगी पडटा. कावळ्याचे दोळे गडद तपकिरी रंगाचे आसून, नदर शिटूक आसता. ताचो आवाज मोटो आनी कर्कश आसता. रान कावळो पुराय काळ्या रंगाचो आसून ताचो आवाज घर कावळ्यापरसूय चड कर्कश आसता. ताची लांबाय सुमार ५६ सेंमी आसता. कावळो हो चोम्यांनी रावपी पक्षी. भारतांत मळाच्या वाठारांत घरकावळो दिश्टी पडटा. १२२० मी उंचायेचेर आशिल्ल्या सगळ्या वाठारांनीय कावळो आसता. तेचपरी १२२० मी. उंचाये परसूय उंच आशिल्ल्या (१८३० ते २१३५ मी.) वाठारांत कावळे आसतात. पूण ह्या वाठारांत तापमान उणें आशिल्ल्यान वा थंय आशिल्ल्या रान कावळ्या खातीर थंय तांचें अस्तित्व कमी प्रमाणांत आसता.

घरकावळो एप्रील ते जून म्हयन्यांत वियेता.

कांय राज्यांत हो काळ फाटिंफुडें आसता. नर आनी मादी दोगांय आपले घोंटेर झाडांचेर, उंच जाग्यार, ताळयांचे खांचीत बांदतात. धागे, काथो, कपयो, बडयो हांचेपसून तयार केल्लो हो घोंटेर वाकडो तिकडो आसता. तातूंत मादी तांतयां घालता. नर आनी मादी उबोवपाचें आनी फुडें पिलांक भरोवपाचें काम आरतून परतून करतात. कांय वेळा कोगूळ कावळ्याक फटोवन आपलीं तातयां ताच्या घोंटेरांत घालता. कावळो आपल्या पिलांबरोबर तांकांय खावपाक घालता आनी वाडयता.

कावळो सगळे तरेचे खाण खाता. तो शिटूक आनी हुशार आसता. हेर पक्ष्याच्या घोंटेरांतली तांतयां, शेतांतलीं कणसां आनी रस्त्याचेर पडिल्ली हळशीक खाता. शारांत वा गांवांत वेगवेगळ्या कारणांक लागून घाण जाता. ती घाण खावन, ना करुंक कावळो मनशाक उपेगी पडटा. कुशिल्ले खावन तो नितळसाण दवरता.



घर कावळो

वैदू लोक कावळे मारून खातात. कावळे मनशाक जशें त्रास दितात, तशेंच हेर पक्ष्यांचेरय हल्ले करतात. घुघूम आनी घोण ह्या पक्ष्यांकय मारपाक हे फाटिंफुडें रावनात.

सांस्कृतीक संदर्भ : कावळ्याचे रंग काळो, आवाज कर्कश आनी सभाव पाडो आसलो तरी भारतीय संस्कृतींत ताका कांय वेळार खाशेलो मान दिल्लो आसा. कावळ्याच्या आंगांत मेल्ल्या मनशाचो आत्मो रावता अशें हिंदू समाज मानता. मनशाचे मर्ण क्रियेउप्रांत धाव्या दिसा दशपींड विधी करतात. हे विधींत काळे तीळ आनी तांदळाचें पीठ कलसून पींड तयार करतात. तांचेर धार्मीक विधी करून ते उक्ते सुवातेर दवरतात. ह्या पिंडांक कावळ्यान येवन चोंच मारले बगर दशपींड विधी पुराय जायना. कावळ्यान पिंडाक स्पर्श करसर, पिंडविधी करपी पिंडाच्या आसपास बसून रावता. कावळ्यान पिंडाक चोंच लायतकीर मेल्ल्या मनशाचो आत्मो उपस्थीत जालो अशें मानता. बरोच वेळ कावळो आयलो ना, तर मेल्ल्या मनशाच्या आत्म्याक ताची अपुरी उरिल्ली इत्सा पुराय करपाचे वा ताच्या फाटल्यान ताच्या घरच्यांक सांबाळपाचें उतर दिवप जाता. आपल्या मनासारकें उतर मेळले बगर आत्मो येना आनी म्हणून कावळो पिंडाक आफडना अशें समजप जाता. मनशाच्या वर्स स्राद्धांक तशे हेर धार्मीक विधींवेळार, मेल्ल्या मनशाच्या नांवान कावळ्याक काकोळ (निवेद) दितात. हें निवेद्याचें पान (वाडी) उंचायेर म्हणजे चडशें घराचे पडवेच्या पांख्यार (नळ्यांचेर), कावळ्याक खावपाक बरें पडचें ह्या उद्देशान दवरता, आनी काव काव करून कावळ्याक आफयता.

कावळ्याच्या रडपासंबंधी वेगवेगळ्या वेळार वेगवेगळे संकेत मानतात. सकाळफुडें घरार कावळो रडलो तर तेदिसा सोयरो घरांत येतलो अशें समजता.

तिनसांजचो कावळो रडलो तर तें अशूभ मानता. ल्हान भुरग्याक पोटाक दिताना (जेंवयताना) कावळ्याक 'काक्या – काक्या' म्हणून भुरग्याची आवय उलो मारून भुरग्याक कोको (अन्न) भरयता. कावळो हो देशभर भोंवपी पक्षी जाल्ल्यान, घोवाघरा गेल्ली चली, आयल्या कुळाराची खबर कावळ्याकडसून घेवपाक उत्सूक आसता अशा आशयाचीं कोंकणी लोकगितां आसात. गोंय सोडून केरळ – कर्नाटकांत गेल्ल्यां कोंकणी मनशांच्या लोकगितांत हो असो संदर्भ आयला. गोंयची याद काडपी गोंयांभायली एक बायलमनीस आपलें मनोगत सकयल्या लोकगितांतल्यान उक्तें करता :

काक्या तूं गोंयां गेलोल वे ?
पुताक्को मामा दिकील वे?
आज फाय येतलो म्हण्टालो वे?

ह्या लोकगितांतल्यो फुडल्यो वळी ते बायलेची गोंयापासून पयसावल्याची खंत दाखयता :

मळबांतू दुदा चांदीणें पावलें
मोगार्यां फुलां शिंवडोनू पोळ्ळें
मलबारां या गावां गुंवसोणू पावले
काक्या तूं गोंयां गेलोल वे?

वयल्या कवनाचो सारांश अर्थ असो आसा. झाडावयल्यान सकयल पडिल्ल्या मोगऱ्या फुलावरी आमी मलबाराच्या ह्या गांवांत आमी घुपसून पडिल्ल्याचें मोने दुःख वयल्या कवनांत स्पश्ट जालां.

कावळो हो मनशांचो लागिंचो पक्षी अशे मानतानाच, ताच्या काळ्या रंगाक लागून आनी कर्कश आवाजाक लागून ताका कांय शूभ प्रसंगांनी अशूभ मानला. न्हांवन धुवन धार्मीक कार्य करपाक भायर सरिल्ल्याक कावळो आफुडलो तर तें अशूभ मानून, पर्थून न्हांवन – धुवून घेवचें लागता. आदल्या तेंपार मासीक पाळयेच्या काळांत बायल मनीस वेगळी बसताली. ह्या काळांत तिचो कोणाक वा कोणाचो तिका स्पर्श जावंक जायना आसलो. हें आफूड

पिलाक भरयताना.

भश्टेपण सांगताना तिका कावळो आफुडला, म्हणून तिका आफडूंक जायना अशा उतरांनी सांगताले. हातुंतलो कावळ्याचो उल्लेख हो असो अशुभकारी आयला.

कावळ्याचे भाशेंत (रडपांत) कसले तरी संकेत (संदेश) आसता हो समज पुर्वपार चलत आसा. पूण हो समज आतां शास्त्रीय रुपांतल्यान पळोवपाचो

भाशा शास्त्री प्रयोग करूंक लागल्या. शिमला हांगच्या पांडुलिपी रिसर्च सेंटराक एक हात बरप मेळलां. टांकरी लिपयेंतल्या सुमार २०० पानांच्या ह्या 'काग-भाषा'च्या हात बरपाक ३०० वर्सांचो इतिहास आसा अशें जाणाकारांचें मत आसा. ह्या हातबरपांतल्या मजकुरावयल्यान खंयच्या वेळार (फांतोडेर, सकाळीं, दनपारां, तिनसानां) आनी खंयचे दिकेन (पूर्व, पश्चीम, दक्षीण, उत्तर) कावळो रडटा ताचेवयल्यान संकेताचो अर्थ काडप शक्य आसा, अशें भास - तज्ञांक दिसता. भाशा-तज्ञ ह्या हातबरपाचेर संशोधन करतात.

कावळ्यावयल्यान जाल्ल्यो कांय कोंकणी म्हणीः

१) कावळो उडलो आनी खांदी मोडली (योगायोगान घडिल्ली गजाल)

२) कावळ्या शापान गाय मरना (अशक्ताचे इत्सेन सशक्ताचें वायट जायना.)

३) कावळ्याचो दोळो तोंनशार. (दर एकल्याचें आपलें लक्ष्य आसता.)

४) कावळ्याक दुदान न्हाणयलो म्हणून धवो जाता? (निजाचो गूण पयस जायना.)

५) मोरा पाखां लायली म्हणून कावळो मोर जायना. (अडेचो भेसान व्हडपणा येना.)

- सं. मं.

- डॉ. शिवराम कामत

कावळ्या दोळो : (लॅटीन - Commelina benghalensis.)

ल्हान आकाराची वनस्पत. शेतां, वाटो हाचेकुशीक सरळ जमनीर जावपी ही वनस्पत. हाची पानां दाट, हळडी पानां सारकीं लांबट तोंकां आशिल्लीं आसता. हाका लेंव जांभळ्या रंगाची वाटकुळीं कपां सारकीं फुलां येता. फुलांचो आकार आनी रंग कावळ्याच्या दोळ्या सारको आशिल्ल्यान ताका 'कावळ्या दोळो' हें नांव पडलां. ही वनस्पत वखदी आनी शीतळ वातावरण निर्मिती करपी आसा.

- सं. मं.

कावळ्या फोव : लॅटीन - Eragrostis unioloides (Retz.) Nees ex steud (Poaceae) सपाट जमनिचेर जावपी सुमार ४ इंच उंचायेचे ल्हान आकाराचीं वनस्पत. तणासारकीं लांब तोंकाचीं पातीं कशीं पानां आनी जमनिरसून वयर सरिल्ल्या तणा आकाराच्या खोडाक एका वयर एक अशा खांद्याक फोवाच्या आकाराच्या फुलांचो घोस लागता. फुलांमदीं बारीक वाटकुल्यो बियो आसता. कावळे धरून हेर सवणीं हाची फोवा आकाराची फुलां आनी बियो खातात. हाचेवयल्यान ह्या झाडाक 'कावळ्या फोव' हें नांव पडलां. थंडी जाल्यार हाचो कसाय करून पितात.

- सं. मं.

कावी कला : कोंकणांतली एक खाशेली एकरंगी (तांबडी) चित्रकला. कोंकणांत मेळपी तांबडे मातयेन देवळांचे वण्टीर खांब्यांचेर आनी गिरेस्त लोकांच्या घरांचे वण्टीर खांब्यांचेर पितरायल्ली ही चित्रकला. आदल्या काळांत ही चित्रकला लागीं लागीं सगळ्या देवळांनीं पळोवंक मेळटाली. तेन्ना पितरायल्ली ही चित्रकला आजय कांय देवळांचे वण्टीर दिसता. कोंकणी वाठारांत पावसाचें प्रमाण चड जाल्ल्यान, पावसी वातावरणांत तग धरून रावपी कावी रंगाचो वापर हे चित्रकलेंत जाला.

कोंकणांतले जमनींत मेळपी खाशेल्या गुणधर्माची तांबड्या रंगाची 'कावी' वा 'हुरमंजी' माती चाळणींत गाळून घेतले उप्रांत, तिचो पिठो ओल्या चुन्यांत मळून काविची चिकट अशी लादी तयार करतात. चुन्याच्या गुणधर्माक लागून कावी वण्टीर दसून उरपाक मजत जाता. हो काविचे लादयेचो पातळ लेप चित्राच्या आकारायेदो वण्टीर सारयता आनी उप्रांत कागदावयल्या चित्राप्रमाण, ह्या लेपांतल्यान चित्राच्या आकाराभायलो लेप तोंक आशिल्ल्या लोखणी खुरप्यान (कांट्यान) काडून उडयता. नाका आशिल्लो लेप काडून उडयलो म्हणटकीर वण्टीर चित्रापुरतो लेप उरिल्ल्यान धवे वण्टीर तांबड्या रंगाचे चित्र उठून दिसता. चित्रांतल्या आकृतिंचें दोळे, केंस, वस्ती (दागिने) सारकिल्ल्यो बारीक कलाकृती दाखोवंक तोंक आशिल्लें बारीक लोखणी सुयेसारकें शस्त्र वापरता.

हे चित्रकलेचें खाशेलेंपण म्हणजे ह्या चित्रांतल्यान दिसपी चित्रकाराची अप्रतीम कळाशी. हीं चित्रां एक रंगी आशिल्ल्यान चित्रांतल्या प्रतिमांच्या तोंडावयले वेगवेगळे भाव (लज, प्रेम, खोशी, तृप्ती, तिडक, वैराग्य) दाखोवप हें भोव कठीण आशिल्लें. पूण चित्रकारानीं हे सगळे भाव आपले कलेचे कळाशेन परिणामकारी केल्यात. कांयकडल्या चित्रांनीं तर उजवाड आनी काळोख हांचो परिणाम एकाच तांबड्या रंगाच्या माध्यमांतल्यान पूण खाशेल्यो छटा वापरून दाखयला.

सद्याक अस्तित्त्वांत आशिल्ल्या चित्रांचो अभ्यास केल्यार ह्या चित्रकारांचें आनीक एक वैशिश्ट्य दिसता. ह्या चित्रांनी महाभारत, रामायण, पुराणां हातुंतल्या प्रसंगाचेर आधारीत चित्रां काडिल्लीं आसात. चित्रांतल्या व्यक्तिमदलें संबंध, तांचें व्यक्तिमत्त्व, थंयचो घटनाक्रम, ते वेळची सामाजीक, राजकीय परिस्थिती हांचें चित्रांतल्यान दर्शन घडटा. म्हणजेच चित्रकारांक ह्या सगळ्या घटकांचो खोलायेन अभ्यास आसलो हें प्रतीत जाता. तशेंच ते वळचे नाच, वाद्यां, शस्त्रां, आभुशणां, मोनजात, वनस्पत हांचें थंय आकर्शक आनी अर्थपूर्ण चित्रण जाल्ल्यान ह्या कालाकारांच्या विद्वत्तेचो अदमास मेळटा.

चड अप्रुपाची गजाल म्हणजे चित्रांत देव, राकेस, रुशी, दादलो, बायल, भुरगो-जाण्टो ह्यो प्रतिमा ज्युस्ताक ज्युस्त रंगयल्यात. ह्या कलाकारांक प्रतिभा-शास्त्र अवगत आसली हाची प्रचिती येता.

कावी चित्रकलेंत देव, राकेस, मोनजात, वनस्पत हांच्या चित्रणां वेरवीं आदल्या ग्रंथांतले प्रसंग चित्रीत जाल्यातच. तेभायर रांगोळिच्या नमुन्याच्यो कलाकृती तशे वेल बुट्टी प्रकाराचेंय चित्रण जालां. ह्यो अशो

कलाकृती वण्टिच्या वयल्या आनी सकयल्या भागाकडेन वणतभर आनी कूडभर चारय वण्टिंचेर सलगतायेन पितरायल्या. तशेंच दाराचे चवकटी भोंवतणी, जनेलाच्या कांठा भोंवतणी अशो नक्षिदार चित्राकृती चित्रायल्या. तेभायर देव देवतांच्या सभोंवतणी प्रभावळिच्या रुपांत रंगयल्या. कांय चित्रांक चमत्कारीक केल्ली दिसात. दोन तोंडां, चार पांय आनी दोन शेपड्यो हाची एके विशिश्ट पद्धतीन मांडावळ करून, तातुंतल्यान चार माकडांचीं आंगां सुचीत केल्लीं पळोवंक मेळटा. एकाच चित्रांतल्यान हती आनी बैल अशो दोन कृती प्रतीत जाल्ल्यो दिसता.

एका काळांत कोंकणांतल्या (महाराष्ट्र, गोंय, कर्नाटक) देवळांनी आनी गिरेस्तांच्या वाड्यांनी विकसीत जाल्ली ही खाशेल्या नमुन्याची कोंकणी चित्रकला काळाआड जायत जल्ल्या. एक तर, ही कला जाणा जाल्ले कलाकार आतां उरूंक ना. दुसरें म्हणजे, लोकांच्या आधुनीक कला आस्वादनांत कावी कला आदल्या इतली उरूंक ना. कावी चित्रकला ही फकत एकाच तांबड्या रंगाची एक रंगी चित्र कला जाल्ल्यान, भोव रंगी कला – अविश्कारांत ती फाटीं पडूंक लागल्या. तेभायर कावी कला हें बारिकसाणिचें आनी तितकेंच किचकटिचें वेळ खायरें काम आशिल्ल्यान आमच्या जलद जिवन शैलिंतल्या वेव्हारांत तें जुळना जालां. कावी रंगाची निर्मितीय आतां सपासप करूंक मेळना. तशेंच आधुनीक रंग (वॉर्नीश–पेंट) आतां चड काळमेरेन टिकपी, रंगोवपाक बरे पडपी आनी जायत्या प्रमाणांत उपलब्ध जाता आशिल्ल्यान तांचो वापर जावंक लागला. पर्थून हे रंग मारपी जायते जाण उपलब्ध आसात. हें रंग काम कावी रंगकामा परस सोंपें तशें



जलद जावपी आसा.

कावी कला आशिल्लीं देवळां हीं चडशीं खूप पोन्नीं देवळां आसात. तांची बांदावळ आतां जिर्ण जाल्ल्यान तातुंतली बरींच दुरुस्ती केल्यात वा पुरायपणान नव्यान बांदल्यात. अशें करताना वण्टी तासच्यो वा मोडच्यो पडल्या आनी तेवेळार तांचेवयली कावी–कला नश्ट जाल्या. कांय देवळांच्यो वण्टी खराब जाल्ल्यान तशें मुळची कावी–चित्रां बुरशीं जाल्ल्यात आनी तीं तशाक तशीं पर्थून काडपी मेळ नाशिल्ल्यान तांचेर शिमीट वा आधुनीक रंग मारून तीं पुसून उडयल्या. कांयजाणांनीं तांबडें एनेमल (enamel) रंग वापरून पोरन्यां चित्रांक नवो रुपकार दिवपाचो यत्न केला, पूण हो यत्न तांकां निजाची कलात्मक सोबितकाय दिवंक यशस्वी जावंक ना. उरफाटें ह्या प्रयोगांत तीं चित्रां आपली सोबितकाय वगडावन बसल्यात. तातुंतल्या तातूंत एक आशादायी घडणूक घडल्या. मंगळुरच्या विश्व कोंकणी केंद्राचे इमारतींत कावी–चित्रकला रंगोवन हे कलेचें पुनरजीवन करपाचें

तोखणायेचें काम जालां. हे कलेसंबंधी आनीक एक बरी गजाल घडल्या. कर्नाटकांतल्या उत्तर कन्नड जिल्ल्यांतल्या होन्नावर हांगचे डॉ. कृष्णानंद कामत हाणे 'कोंकण्याली काविकला' हें, हे कलेसंबंधी संशोधनात्मक रितिचें कन्नड भाशेंत पुस्तक बरोवन, फुडाराचे पिळगेखातीर हे कलेचें लिखीत रुपांतलें संवर्धन करून दवरलां (२०००). ह्या पुस्तकांतले म्हत्त्वाचे माहिती वांगडाच तातूंत गोंय आनी कर्नाटकांतल्या देवळांनी अस्तित्त्वांत आशिल्ल्या हे कलेचे जायते नमुने चित्रां पुस्तकांत छापून तेसंबंधी अभ्यासपूर्ण विवेचनय दिलां. ह्या कन्नड पुस्तकाचो डॉ. कृष्णानंद कामत हिची घरकान्न श्रीमती ज्योत्सना कामत हिणें देवनागरी कोंकणींत केल्लो अनुवाद गोंयच्या गोवा कोंकणी अकादेमीन प्रकाशीत केला. (२००७).

– सं. मं.

कावेरी न्हंय : दक्षीण भारतांतली एक मुखेल आनी पवित्र न्हंय. तिका 'दक्षिणेंतली गंगा', अशेंय म्हणटात. भारतीय पुराणांत हे न्हंयेक मानाची सुवात आसा. स्कंदपुराणांत हे न्हंयेची उत्पत्ती कथा फुडले तरेन येता.

श्रीविष्णुन एक चली ब्रह्मदेवाक दिली. फुडें कवेर नांवाचो एक ऋषी दक्षिणेंत ब्रह्मगिरीचेर स्वताक भुरगे जावचें म्हूण तप करपाक लागलो. कवेर ऋषीच्या तपाचेर खोशी जावन ब्रह्मदेवान आपणाक विष्णुकडल्यान मेळिल्ली चली ताका दिली. ते चलयेचें मूळ नांव 'लोपमुद्रा' आसलें. पूण कवेराची चली म्हूण उपरांत तिका 'कावेरी' हें नांव पडलें. कावेरीक हेर लोकांक आदार दिवपाची इत्सा आसली. तेखातीर तिणें खर तप करून त्रिदेवाकडल्यान न्हंयच्या रुपान रावपाचो वर मागून घेतलो. एक फावट अगस्ती ऋषी ब्रह्मगिरीक आयिल्ले आसतना ताचे नदरेक 'कावेरी' पडली. तिच्या सोबीत रुपाचेर तो भाळ्ळो. तिणें तिका लग्न करपा संबंदी विचारलें, तेन्ना कावेरीन ताका एक अट घाली की, ताणें एक खिणय तिका सोडून रावचें न्हय. अगस्ती ऋषीन अट मान्य केली आनी तिचेवांगडा लग्न केलें. फुडें एक दीस अगस्ती ऋषी भोंवडेक वचपाक भायर सरलो आनी अशे तरेन कावेरीची अट ताणें मोडली. कावेरीन रोखडेंच न्हंयचें रुप घेतलें आनी ती दोंगरावेल्यान सकयल देंवली. अगस्ती जेन्ना आपली भोंवडी सोपोवन घरा परतलो तेन्ना ताका ही दुखेस्त गजाल कळ्ळी. ताका खूब दुख्ख भोगलें. ताणें तिका परत येवपाखातीर खूब विनयली. निमाणे कावेरीक अगस्तीची दया आयली. तिणें रोखडीच दोन रुपां धारण केलीं. एका रुपान ती न्हंय म्हूण व्हांवत रावली, तर दुसऱ्या रुपान अगस्तीची बायल म्हूण रावली.

'मणिमेखला' ह्या महाकाव्यांत अगस्ती ऋषीन कावेरी न्हंय उत्पन्न केली, अशें म्हळां. बलरामान कावेरीची यात्रा केल्ली अशें भागवत पुराण (१०.७९.१४) सांगता. हिचे देगेर श्राद्ध करचें अशें ब्रह्मांडपुराण सांगता.

इ. स. च्या पयल्या शतमानांत कारिकाळ चोळ हाणें कावेरीचेर जायते कालवे आनी मुशी बांदल्यो. चिक्कदेव राजान सतराव्या शतमानाच्या शेवटाक हे न्हंयेचेर तीन धरणां बांदलीं.

पल्लव राजाचें राज्य कावेरी न्हंयचे देगेरच आसलें. ते तिका श्रद्धेन भजताले. द. भारतांतल्या शिलालेखांत कावेरीचो सबंद चोळ राजांकडेन जोडला. संघकालीन तामिळ वाङ्मयांत कावेरीची तोखणाय करप हो एक

नेमच असो जावन पडिल्लो दिसता.

कावेरी न्हंय कर्नाटक राज्यांतल्या कूर्ग जिल्ल्यांत ब्रह्मगिरी दोंगराचेर १४२५ मी. उंचायेर उगम पावता. तिची लांबाय ७६० कि. मी. आसा. उदकाची येरादारी करपाक हे न्हंयेचो ९४,४०० चौ. किमी. वाठार वापरूं येता. सुरवेक ही न्हंय आग्नेये वट्यां व्हांवता. उपरांत ती व्हांवपाची दिका जायते फावट बदलता. पयलीं उदेंतेक, मागीर ईशान्येक, उपरांत आग्नेयेक, मेत्तुर जलाशयापयलीं कर्नाटक तामिळनाडू शिमेर नैऋयेक, मेत्तुर जलाशयाकडसून तामिळनाडूच्या कोईमतूर आनी सेलम जिल्ल्यांचे शिमेवेल्यान दक्षिणेक, भवानी ते श्रीरंगम्मेरेन आग्नेय दिकेक आनी उपरांत उदेंतेकडेन व्हांवता.

कावेरी न्हंयचो एक फांटो कॉलेरून नांवान ईशान्येकडल्या वचून, चिदंबरम्चे दक्षिणेकडल्यान बंगालच्या उपसागराक मेळटा. दुसरो फांटो तंजावरच्यान वचून नागापट्टणम्लागीं दर्याक मेळटा. कावेरीचो ब्रह्मगिरी ते कुशलनगर मेरेनचो वाठार दाट जंगल आनी ऊंच दोंगरांतल्यान वता. उपरांत ती कर्नाटक पठाराच्या मलनाड भागांतल्यान वता. हो वाठार ३५ कि. मी. रुंद आनी १००० मी. ऊंच आसा. फुडें ती पठाराच्या सपाट भागांतल्यान वता. कावेरी न्हंय चडशी फातरट भागांतल्यान व्हांवता. हांगा ग्रॅनाइट फातर व्हड प्रमाणांत दिश्टी पडटात. तिच्या मार्गांत जायते नेटाचे प्रवाह आनी धबधबे तयार जाल्ले आसात. तातुंतलो चंचनकट्टी धबधबो सोबीत आसा. कावेरी न्हंय फुडें उपरांत ३०० ते ४०० मीटर रुंद जाता तातूंत श्रीरंगपटण हो जुंवो वसला. शिवसमुद्रम् हांगा प्रवाहाचे दोन वांटे जावन मदीं जुवो तयार जाला. हांगाच्या अस्तंतेकडल्यान प्रवाहाक गगनचुक्की, तर उदेंतेकडल्या प्रवाहाक भारचुक्की म्हणटात. ही न्हंय एरोड सांवन श्रीरंगम् हांगा येतकच आनीक एक जुंवो दिसता. कर्नाटक राज्यांत कावेरीक ककब्बे, सुवर्णवती, हेमावती, शिम्शा, कर्णावली, कब्बनी ह्यो उप न्हंयो येवन मेळटात. तमिळनाडू राज्यांत भवानी, नोयिल आनी अमरावती ह्यो न्हंयो येवन मेळटात.

म्हैसूर सांवन १८ कि. मी. अंतराचेर हे न्हंयक धरण घालून कृष्णराजासागर नांवाचो जलाशय बांदला. थंयच 'वृंदावन' नांवाची सोबीत बाग तयार केल्या. भोंवडेकारांखातीर कर्नाटकांतलें हे, प्रेक्षणीय थळ आसा. शिवसमुद्रम् हांगा ही न्हंय १०० मी. खोल देंगणांत उडी घेता. ह्या धबधब्याच्या आदारान १९०२ सावन हांगा विजेची निर्मणी जाता. ही वीज शेताच्या कामाखातीर, कोलारच्या भांगराखणीक तशेंच बंगलोर कर्नाटक राज्यांत कावेरीक जायते बांद घालून म्हैसूर आनी कोलार शारांक पावयतात. तिचें उदक शेतांत पावयिल्लें आसा. सेलम जिल्ल्यांत मेत्तूर हांगा कावेरीचेर व्हड धरण आसा. हें १९३८ वर्सा बांदिल्लें. हांगा व्हड प्रमाणांत विजेची निर्मणी जाता.

कावेरी न्हंयचे देगेवयलो वाठार सोबीत सुंदर आसा. तिरूचिरापल्ली उपरांत हे न्हंयचे देगेक सगळो पिकाळ वाठार आसा. तंजावरांच्या वाठाराक दक्षीण भारतांतली बाग म्हणटात. भात, नाल्ल, केळीं, तंबाखू, ऊंस भिकणां, कापूस, मिरसांगो, काफी, वेलदोडे, तेलबियो, काजू, मिरयां, चंदन, बांदकामाचें लाकूड, रेशमी सारकीं झाडावरवीं मेळपी उत्पन्नां तर हिरे, माणकां, मँगेनीज, लोखण सारकिल्ले धातू कावेरीचे देगेर आनी हेर वाठारांत आशिल्ल्यान हो वाठार संपन्न जाला.

गंग, होयसळ, चोल आनी हेर राजे तेचपरी टिपू सुलतानाच्या काळांतले इतिहासीक अवशेश

कावेरी न्हंयचे देगेक दिसतात. श्रीरंगपट्टण, श्रीरंगम्, कुंभकोणम्, तंजावर, तिरुवैय्यर, कावेरीपटनम् सारकीं तिर्थस्थळां, तेभायर गोपूरां, व्हड व्हड देंवळां, सोबीत नगरां, सुंदर तलाव हांची दाटी जाल्ल्यान सांस्कृतीक आनी इतिहासीक नदरेन हो वाठार गजबजिल्लो दिसता.

श्रावण म्हयन्यांत कावेरीच्या उगमाकडेन एक व्हड जात्रा भरता. जात्रेक येवपी लोक उगमाच्या कुंडांत न्हांतात आनी थंय आशिल्ले कावेरीचे पाशणमुर्तीची पुजा करतात. कोडगू आदिवासी खासा त्या वेळार थंय न्हांवपाक येतात. तुलासंक्रमणाच्या काळांत गंगा न्हंय गुप्त रुपान कावेरी न्हंयच्या प्रवाहांत येता आनी लोकांचीं पातकां धुवन उडयता अशी समजणी आसा.

कर्नाटक आनी तामिळनाडू ह्या दोन राज्यांतल्यान व्हांवपी कावेरी न्हंय ह्या दोनूय राज्यांची उदकाची गरज थोडे - भोव प्रमाणांत भागयता आसली, तरी शेतांखातीर आनी विजेची निर्मणी करपाखातीर उदक चड प्रमाणांत जाय पडिल्ल्यान दोनूय राज्यां कावेरीच्या उदकाचो व्हड वांटो सोदतात. वयल्या कारणांक लागून निर्माण जाल्लो 'कावेरी - उदक तंटो' अजून सोंपलो ना.

– सं. मं.

काश्त्रु, तॉमांश द् : (जल्म : ?, मरण : १६८९).

क्रिस्ती धर्म फुडारी. दिवाडे वाठारांतलो. गोंयचो नामनेचो बिशप, मॅथ्यू द काश्त्रु हाचो तो पुतणयो आशिल्लो. आपल्या काकाभशेन ताणें थियेटाइन पंथांत प्रवेश केलो.

१९७१ वर्सा तो बिशप जालो. १६७७ वर्सा पोप क्लेमेंत धावो हाणें ताका आपोस्टोलीक प्रतिनिधी म्हूण कोचीन, टानोर, गिंगे, मदुराई, म्हैसूर, क्रांगाबोर, कानानोर आनीमंगळूर ह्या वाठारांत धाडलो. केनाराच्या न्याय पद्धतिविशीं पाद्राआंदोच्या मुखेल्याकडेन ताचे खर मतभेद आशिल्ले. पाद्राआदोच्या न्यायपद्धतीक लागून आनी प्रचाराच्या प्रांतांक लागून (Jurisdiction of padroado, Propaganda Territories) ताचे पोर्तुगेजांकडेन मतभेद जाताले.

– सं. मं.

काश्त्रु मॅथ्युस द : (जल्म : १६०९ दिवाडी, मरण १६७९, रोम).

पयलो नामनेचो गोंयकार बिशप. ताणें आपलें मुळावें शिक्षण गोंयांत, वेरेंच्या रेईस मागूस वाठारांतल्या फ्रासिस्कन कॉलेजींत घेतलें. ताका फ्रांसिस्कन पंथांत वचपाचो हक्क नाशिल्लो. तो रोम शारांत गेलो आनी थंय ताणे थियेटाईन पंथ (Theatine order) आपणायलो. थंय धर्मीक फुडारी (Priest) म्हूण तांची नेमणूक जाली.

उपरांत ताणें धर्मशास्त्रांत डॉक्टरेट ही पदवी घेतली. १६३७ वर्सा तो बिशप जालो. विजापूर, गोलकोन्डा, पेगु (ब्रह्मदेश) आनी लबीसिनीया (आफ्रिका) हांच्या 'सेक्रेड क्रोंग्रिगेशन ऑफ द प्रोपोगेशन ऑफ द फेथ' (Sacred congregution of the propagation of the faith) हे कमिटीन 'व्हिकार ओपोस्तोलीक' म्हूण ताका भारतांत धाडलो. तो दिवचल गांवांत येवन स्थायीक जालो.

तेन्ना दिवचल गांव विजापूर राज्याच्या शेकातळा आशिल्लो. फुडें ताणें दिवचल, बांदा आनी वेंगुर्ला ह्या वाठारांत जायत्यो इगर्जी बांदल्यो. पाद्रादोचे न्यायपद्धतिखातीर आनी प्रचाराच्या प्रांताखातीर (Jurisdiction of padroado, Propaganda Territories) ताका पोर्तुगेजांकडल्यान खर विरोध सोंसचो पडलो. पूण तो ओगी बसलो ना. ताणे पोर्तुगेजांआड आपली कारवाय चालूच दवरली.

पोर्तुगेजांक भारता भायर धांवडावपाखातीर ताणें विजापुरच्या सुल्तानाचो पालव मागलो. थंयच्च्या थळाव्या धर्मप्रसारकांनीय ताका कांय प्रमाणांत आदार दिलो. पूण ताका ताच्या ह्या वाठारांत यश मेळले ना.

– सं. मं.

काश्टी नेसिल्लो रेंदेर

काश्टी : दादल्याचें भेंडावयलें एक नगी वस्त्र. हें वस्त्र म्हटल्यार सुमार एक मिटर लांबाय – रुंदयेचें चवकोनी हातमागी सुती कापड. हाका ‘लेस’ म्हणटात. तें चडशें तांबड्या रंगाचें आसून, ताचेर धव्या रंगाच्या सुताचे चौकोन आसता. ह्या वस्त्राच्या चार पोंतांमदलें एक पोंत, भेंडाक बांदिल्ले मुंजीचें (भेंडा भोंवतणी बांदिल्लो सुती दोरो) फुडलें वटेंतल्यान, (पोटा सकयली बाजू) तोंपून दोनय पायांमदसून मुजीक खोयता. उरिल्लीं तीन पोतां फुडल्यान (पोटासकयल) मेकळीं सोडटात. काश्टेचे हे रचनेंत न्हेसतल्याचें गुप्तांग वस्त्रापोंदा वेवस्थीत धांपता. फुडल्यान मेकळें सोडिल्ल्या वस्त्राचीं कुशिची दोन पोंतां भेंडाचे दावे – उजवे वटेन खोयतकीर आनी चवथें तोंक सकयल लांबतकीर, न्हेसतल्याच्या मांडयांचो फुडलो भाग वस्त्रापोंदा धांपता. न्हंयेंत नुस्तें धरपी वा झाडावयलीं फळां काडपी लोक आपले काश्टेचें सकयल लांबपी चवथें पोंत बोंबले सकयल मुजीक खोवन दुसऱ्या, तिसऱ्या आनी चवथ्या पोंतांमदीं ओंट (पोतयेसारकी खोळ) निर्माण करून तातूंत नुस्तें, फळां दवरपाची वेवस्था करता.

हेर कडेन वापरांत आशिल्ल्या लंगोटी ह्या न्हेसणासारकोच काश्टी हो न्हेसण प्रकार आसलो, तरी लंगोटी तयार करूंक खाशेले शिलायेची गरज लागता तशी काश्टेक लागना. तेभायर लंगोटी हें चड करून भितरलें वस्त्र (अंतःवस्त्र) म्हण वापरप जाता.

गांवगिऱ्या वांठारांनी काश्टी ही चडशी भायलें वस्त्र (बाह्यवस्त्र) म्हण वापरतात. गांवांभायर वचपाचें आसल्यार लेगीत आदल्या काळांत काश्टी न्हेसुनूच वताले. भेंडा सकयलें चडांत चड आंग उक्तें घालपी हें वस्त्र न्हेसून गांवांतल्यान शारांत योवपी दादल्यांचेर आनी हड्डें उक्तें घालपी देठली न्हेसून येवपी बायलांचेर पुर्तुगेज सरकारान बंदी घाल्ली. हे बंदीक लागून तशें सामाजीक सुधारणेक लागून बाह्यवस्त्र म्हणून काश्टी वापरप ल्हव ल्हव उणें जायत गेलें. तरी, भितरलें वस्त्र म्हणून काश्टी वापरप हालीं मेरेन सर्रास चलतालें. आजय गांवगिऱ्या वाठारांतले कश्टकरी लोक काश्टेच्या सोपेपणाखातीर कांय प्रमाणांत काश्टी न्हेशिल्ले पळोवंक मेळटा. नवे पिळगेन मात काश्टेचो स्विकार केलोना. तांणी काश्टेचे सुवातेर भितरलें वस्त्र म्हणून बाजारांत उपलब्ध आशिल्ल्या चेड्ड्यांचो (under wear) वापर केलो. काश्टी – न्हेसणान भेंडासकयलें चडांत चड आंग उक्तें उरता आशिल्ल्यान तें असभ्यपणाचें आनी पर्यायान मागासलेंपणाचें लक्षण समजल्ल्यान चालू जमान्यात गांव तशें शारांतले लोक वालो (अर्द-पुडवे), पुडवें, कालसांव, पँट सारकिल्लीं चडांत चड आंग धांपपी वस्त्रां पसंत करता आशिल्ल्यान 'काश्टी' हें वस्त्र काळा भायरें जावपाचीं लक्षणां दिसता.

काश्टेचो संदर्भ घेवंन आयिल्ल्यो कांय कोंकणी म्हणी :

१) काश्टी भिजयलेबगर थिगूर (एक नुस्तें) मेळना. (बरी वस्त मेळयतलो तर साहस करचें पडटा)

२) बोमलीभर उदकांत देवूंन काश्टी सुकी दवरप. (वेव्हारांत आपली ऐपत सुगूर करप)

– सं. मं.

काशांव : किरिस्तांव समजाची शव-पेट. किरिस्तांव समाजांत मेल्ल्या मनशाची कूड काशांवांत दवरता आनी तिका काशांवासयत मातयेक लायता (पुरता). 'काशांवं' हें उतर पुर्तुगीज 'कायश' (Caixa) म्हणजे 'पेट' ह्या उतरावयल्यान आयलां. काशांव म्हणजे मनशाचे लांबायेयेदी लाकडाची पेट. हिच्यो तिनय बाजू घट्ट बंद आसता आनी चवथी वयली बाजू मेकळी आसता. हे चवथे बाजुचो पेटेचें धापणें कसो उपेग करता. जेन्ना कूड मातयेक लावंक सिमितेरींत व्हरता तेन्ना हें धापणें बंद करून व्हरता. हरशीं लोक दर्शनाखातीर धापणें काडून, कूड उक्ती दवरता. काशांव करपाचे खास कारागीर आसता आनी ते विकपाची खास दुकानां आसता. काशांव विक्तो घेवपी मनशाचे ऐपतीप्रमाण, काशावांची भायली भितरली सजावट आसता. हे लांकडी पेटेक भायल्यान चकचकीत चांदी-भांगरा रंगाचे धातुचे पत्रे बसयतात.

हिंदू समाजांत मेल्ल्या मनशाची कूड उक्ते तिरडेर (निसणीर) न्हिदोवन व्हरता. मसुंडेंत हे तिरडेवयल्यान कूड उखलून मागीर सरणार दवरता. मुसलमान समाजांत निसणिसारकेंच 'ज नाजा' आसता आनी ताचेर कपड्याचें आच्छादन आसता.

– सं. मं.

काशी मठ : गौड सारस्वत समाजांत वैष्णव संप्रदाय अनुसरण करपी मुखेल मठ. मध्वाचार्य (१२३८-१३१८) वैष्णव माध्व संप्रदायाचो 'द्वैत' वेदान्त – सिद्धांत हो ह्या मठाचो पंथ आसा. महर्षी कृष्णद्वैपायन व्यास (ख्रि. पु. ३०४२) हाका हे मठ परंपरेचो आद्य आचार्य मानतात. महर्षी व्यासांची

शिश्य महर्षी पैल पासून ते महर्षी दुर्वास (ए. डी. ४००) मेरेनचे धर्मगुरू ऋषी परंपरेंत येता. महर्षी दुर्वासा वांगडा, गुरुकुल परंपरेचें मठ परंपरेंत रुपांतर जालें आनी ऋषी हे धर्मगुरुचे उपाधिचें रुपांतर यती धर्मगुरुंत जालें. अशेतरेन महर्षी दुर्वास हे परंपरेंतलो पयलो यती, स्वामी ज्ञानधितीर्थ जावन गेलो. तो गुप्त साम्राज्याचो राजगुरु आसलो. ताच्याच वर्चस्वाखाला गुप्त घराणे वैष्णव पंथीय जालें. सम्राट अकबर हो मुस्लीम राज्यकर्तोय काशी मठाच्या धर्मगुरुंक सन्मानान वागयतालो. धरभांक राजघराण्यांतल्या प्रद्युम्नसिंह हाणें ५ व्या शतमानांत काशी मठाखातीर आपलो एक राजवाडो दान केल्लो असो उल्लेख मेळटा.

१५४२ त ह्या संप्रदायाचो मुखेल मठ वाराणसी हांगा ब्रह्मघाटार स्थापन जालो. श्री. व्यास रघुपती हे परंपरेचें आराध्य दैवत आसा. सतराव्या शतकांत काशी मठाधीश, श्रीमद केशवेन्द्रतीर्थ स्वामी जेन्ना गंगा न्हंयेंत बनारस हांगा न्हांण घेताले तेन्ना तांकां वेदव्यासाची मूर्त मेळली. ताणें ती व्हरून पुजेक लायली. काशी मठाचे आनीक एक स्वामी श्रीमद राघवेन्द्र तीर्थ स्वामी हांकां साक्षात उग्रनरशिंवान सपनांत दर्शन दिलें अशें म्हणटात. १७७५ त काशी मठाधीश श्रीमद माधवेन्द्र तीर्थ स्वामी हाणें वाळकेश्वर मुंबय हांगा जिवंत समाधी घेतिल्ली. श्रीमद् भुवनेन्द्रतीर्थ स्वामी हाणें वेद आनी विद्या हाचें प्रचाराखातीर पाठशाला बांदल्यो. बुवनेन्द्रतीर्थ स्वाम्यांचे वरशिश्य श्रीमद वरदेन्द्र तीर्थ स्वामी हाका वेदांचें, वेदान्ताचें आनी शास्त्रांचें यथार्थ गिन्यान आसलें. श्रीमद वरदेन्द्र तीर्थ स्वामीचो शिश्य श्रीमद सुकृतीन्द्र तीर्थस्वामी हाणें गोश्रीपुरम कोची हांगच्या सुंदर वेंकटरमणालया देवळा वयलो राजाचो अधिकार काडून् तें देवूळ लोकांचे स्वाधीन केल्लें.



काशी मठ (बांदोडे) आराध्य दैवत

मध्वाचार्याच्या शिश्यांमदले पद्मनाभ तीर्थ आनी जयतीर्थ (टिकाचार्य) मध्वाचार्याच्या द्वैत सिद्धांताच्या प्रचाराखातीर गोंयांत येवन खुपशा कोंकणी मनशांक 'द्वैत' सिद्धांताची दिक्षा दिली. उत्तरादी मठाचे रामचंद्र तीर्थ हाणें विबुधेन्द्र, हाका सन्यांस दिक्षा दिवन दक्षिणेच्या कुंभकोणांत मठ - स्थापनेक मान्यताय दिली.

यादवेन्द्र तीर्थ हो काशी मठाचो पयलो गुरु. ताणें १६०८ त भटकळ हांगा समाधी घेतली. काशी मठ परंपरेचे राघवेन्द्र तीर्थ हाका विशेश वाक्सिद्धी आसली असो अणभव आसा. तागेले उतर खरें जातालें म्हणटात. ताणें काशीच्या मूळ मठांत लक्ष्मीनरशींव विग्रहाची प्रतिस्थापना केली. ताणें काशीक समाधी घेतली. तागेले शिश्य स्वामी उपेंद्रतीर्थ



काशी मठ बनारस

आनी ताचेउप्रांत देवेंद्रतीर्थ हांणें मठाची परंपरा मुखार व्हेली. काशी मठाचो भुवनेंद्रतीर्थ स्वाम्याक वैदीक विद्ये वांगडाच आयुर्वेद, शिल्पशास्त्र हातुंतूय बरेंच गिन्यान आसलें. सद्याचे विद्यामान सुधींद्रतीर्थ स्वामी हाणें १९५९ त काशीमठ संस्थान विश्वस्थ निधी रजिस्टर्ड केलो. तशेंच बेंगळूर, तिरुपती, नासीक आनी हेरकडेन मठ – शाखा स्थापीत केल्या. हरीद्वार हांगा वेदव्यास स्मरणार्थ व्हड व्यास मंदीर, कल्पीत बालन्यास मंदीर, कुंदापूर तालुक्यांतल्या बसरूर हांगा श्रिभुवनेंद्र बालकाश्रम, कार्कळ हांगा श्री सुकृतीर्थ बालकाश्रम, केरळांत अम्बलमेड हांगा श्री वरदेन्द्र बालकाश्रम स्थापन केल्या. तशेंच पुरोयतपणाचें गिन्यान दिवपी मंगळूर हांगा श्री श्रीनिवास निगमागम पाठशाळा मठावतीन चलता.

काशी मठाची यती परंपरा :

यती	समाधी
१) श्री. यादवेन्द्रतीर्थ स्वामी	भटकळ
२) श्री. केशवेन्द्रतीर्थ स्वामी	बसरुर
३) श्री. उपेन्द्रतीर्थ स्वामी	बनारस
४) यदवेन्द्रतीर्थ स्वामी	हेम्माडी
५) राघवेन्द्रतीर्थ स्वामी	बनारस
६) श्री. देवेन्द्रतीर्थ स्वामी	बंटवाल
७) श्री. माधवेन्द्रतीर्थ स्वामी	वाळकेश्वर, मुंबय
८) श्री. ज्ञानीन्द्रतीर्थ स्वामी	नासीक
९) श्री. यादवेन्द्रतीर्थ स्वामी	होन्नावर
१०) श्री. उपेन्द्रतीर्थ स्वामी	बनारस
११) श्री. राजेन्द्रतीर्थ स्वामी	तरउर
१२) श्री. सुरेन्द्रतीर्थ स्वामी	अलेप्पी

१३) श्री. विष्णूतीर्थ स्वामी बनारस
१४) श्री. विबुधेन्द्रतीर्थ स्वामी मंजेश्वर
१५) श्री. सुमतीन्द्रतीर्थ स्वामी अलेप्पी
१६) श्री. वसुदेन्द्रतीर्थ स्वामी मंजेश्वर
१७) श्री. भुवनेन्द्रतीर्थ स्वामी बसरूर
१८) श्री. वरदेन्द्रतीर्थ स्वामी वाळकेश्वर, मुंबय
१९) श्री. सुकृतीन्द्रतीर्थ स्वामी कोच्चीन
२०) श्री. सुधीन्द्रतीर्थ स्वामी
२१) श्री. संयमीन्द्रतीर्थ स्वामी

काशीमठ शाखाः

१) बनारस – (१५४०) उत्तर भारत
२) भटकळ – उत्तर कन्नड, कर्नाटक
३) बसरूर – दक्षीण कन्नड, कर्नाटक
४) हेम्माडि – दक्षीण कन्नड, कर्नाटक
५) बंटवाळ – दक्षीण कन्नड, कर्नाटक
६) वाळकेश्वर, मुंबय – महाराष्ट्र
७) प्रयाग – उत्तर कन्नडं
८) मंजेश्वर – केरळ
९) पणंबूर (सुरतकळ) – दक्षीण कन्नड, कर्नाटक
१०) रामेश्वरम् (तमिळनाडू)
११) कार्कळ – दक्षीण कन्नड, कर्नाटक
१२) कोटा – उडुपी, कर्नाटक
१३) नयंपळ्ळी – उडुपी, कर्नाटक
१४) भागमंडळ–(कावेरी) –कोडुगु (१९६०)
१५) बांदिवडे – गोंय (१९७२)
१६) पळ्ळिपुरम् – केरळ
११) मंचकल – उडुपी, कर्नाटक
१८) नारावी – दक्षीण कन्नड, कर्नाटक
१९) अलेप्पी – केरळ
२०) कोंचाडी – मंगळूर, कर्नाटक
२१) हंगारकट्टे – उडुपी, कर्नाटक
२२) तिरुपती – (१९८१)
२३) बंगळूर – कर्नाटक (१९८४)
२४) केलिकट – केरळ – (१९८५)
२५) हरिद्वार – उत्तर भारत (१९८८)
२६) चन्नय
२७) नासीक – महाराष्ट्र
२८) बदरि – उत्तर भारत
२९) कल्पी – उत्तर भारत
३०) म्हैसूर – कर्नाटक

– सिद्धापुर वासुदेव भट्ट
– बालाजी शेणॉय

कास – कापड (कास न्हेसण) : बायलांच्या न्हेसणाची पद्दत. आदल्या तेंपार सगळ्या समाजांतल्यो बायलो णव–वारी (२७ फूट लांबयेचें) कापड (न्हेसण) न्हेसताल्यो. ह्या

पुडवें न्हेसण (फाटसून)

कास कापड (फाटसून)

न्हेसणाक मिरयो काडून त्यो दोनय पांयांमदल्यान फाटल्यान घेवंन कंबराच्या मद्यकाक खोयताल्यो. अशे तरेची खोवणी केल्ल्यान, न्हेसतलेचे दोनय पांय न्हेसणापोंदा उरुनय फाटल्यान पांय मेकळो उरिल्ल्यान तांची हालचाल सदळपणान जाताली. न्हेसणाच्या फुडल्या भागाक मिरयो आनी फाटल्या भागाक कास म्हणटा. हे कासीर कापडाची देग येता आनी कापडाचो पदर उजवे वटेनच्यान दाव्या खांदावयल्यान फाटीर लांबता. पांयांचे हालचाली वेळार पांयांचो फाटलो भाग चड उक्तो पडचो न्ही म्हणून पांयांच्या पोवट्यांक गॅटरां (हूक) लावपाची जतनाय घेता. हीं गॅटरां तोंड (खांच) आशिल्लीं स्टिलचीं चेपट्या कांकणां आकाराची आसून तीं न्हेसतलेच्या पांयांच्या आकाराप्रमाण पयस – लागीं करपाक मेळटा. आधुनीक काळांत लागीं लागीं सगळ्यांच समाजांत ६ वारी (१८ फुटी) गोल न्हेसणाची (साडयेची) पद्दत सर्रासपणान चलता आसली तरी धार्मीक कार्यांत सहभागी जातना कांय बायलो आजूय णव वारी कास कापड न्हेसतात. कांय समाजांतल्या जाणट्या बायलांनी दिसपट्टें कांस कापड न्हेसपाचे आजूय परंपरा दवरल्या. देवींचो शिरंगार करताना वा देवींक वेगवेगळीं रुपां दिताना जें न्हेसप करता तें णव वारीच आसता.

दादल्याचें पुडवें (धोतीर) न्हेसणाची मिरयो – कासाट्याची पद्दत ह्या णव वारी न्हेसणावरीच आसता. दादल्याच्या न्हेसणाक बायलांच्या न्हेसणासारको पदर आसना. कांय दादले पुडव्याचें एक तोंक (शेव) खांदार उडयल्लें पळोवंक मेळटात. पूण तो आडवाद समजूंक जाय. कांय दादले परत्या कासाटच्याचें धोतीर न्हेसतात. हातूंत फुडल्यांतल्यान दोनय पांय वस्त्रांनी धांपून उरता आनी

फाटल्यांतल्यान मेकळे उरतात. परत्या कासाट्याचें धोतरां–न्हेसण पांयांक घट उरिल्ल्यान, न्हेसतल्याक चलपा–धावपाक वा चडपा – देंवपाक सोपें जाता.

णव वारी कास कापड वा धोतर न्हेसप ही एक खोशेली कळाशी आशिल्ल्यान, आतांच्या लोकांक ती कळना. अशा वेळार, अशें न्हेसण करचेंच पडलें तर, जाणट्या मनशांकडल्यान वा भट – पुजाऱ्याकडल्यान तितक्यापुरतें न्हेसून घेतात. हालीं तेंपार, लोकांचे गरजे प्रमाण, तयार णव वारी वा धोतराचे न्हेसण बाजारांत उपलब्ध आसा.

– सं. मं.

कासरगोड : केरळ राज्याचे उत्तर शिमेवयलो एक जिल्लो. हो जिल्लो १९८५ त अस्तित्त्वांत आयलो. हो वाठार पयलीं म्हैसूर राज्यांत आस्पावल्लो आशिल्ल्यान, आनी भुगोलीक, सांस्कृतीक नदरेन कर्नाटक राज्याक लागिंचो आशिल्ल्यान ह्या जिल्ल्यासंबंधी कर्नाटक आनी केरळ राज्यामदीं काळ कांय वाद चलतलो. ताचे दक्षिणेक कन्नुर जिल्लो, उत्तरेक दक्षीण कन्नड जिल्लो, पुर्वेक पश्चीम घाट आनी पश्चिमेक अरबी समुद्र आसात. ताचें क्षेत्रफळ १९९२ चौ. कि. मी. आसून लोकसंख्या (२००१) १२,०३,३४२ इतकी आसा. मल्याळम, कन्नड ह्यो मुखेल भासो हांगचे लोक उलयता. विमान, रेल्वे आनी रस्ते अशे येरादारीन हो जिल्लो हेर राज्यांक बरे तरेन जोडिल्लो आसा. कासर गोडच्यान ५० कि. मी. अंतराचेर आशिल्लो मंगळूर विमानतळ आनी काझिकोडसून २०० कि. मिटराचेर आशिल्लो करिपूर आंतरराश्ट्रीय विमानतळ अशा दोन विमान तळाचो ह्या जिल्ल्याक फायदो मेळटा. कासरगोड रेल्वे स्टेशनांतल्यान ताच्या आशी कुशीक आशिल्ल्या सगळ्या मुखेल प्रदेशांत रेल्वे येरादारी चलता. एन्. एच् १७ हो म्हामार्ग ह्या जिल्ल्यांतल्यान गेल्ल्यान केरळ, कर्नाटक आनी तमिळनाडुंतल्या सगळ्या मुखेल शारांकडेन रस्तो–येरादारी चलता.

कासरगोड ह्या नांवाचे व्युत्पत्ती फाटल्यान जायत्यो आख्यायिका आसात. तरी कासरगोड हें उतर दोन संस्कृत उतरांवयल्यान घडलां हाचेबद्दल बऱ्याच जाणांचें एकमत आसा. 'कासार' म्हणजे तळी वा तळें आनी 'क्रोड' म्हणजे खजिन्याची सुवात. कासारगोड हो पुराय जिल्लो न्हंयो, तळ्यांनी भरिल्लो आशिल्ल्यान आनी तांचें सभोवतणी वनस्पत, मोनजात आनी हेर सैमीक संपदा (धन) आशिल्ल्यान ह्या प्रदेशाक 'कासरगोड' हें नांव सारके सोबता. ह्या प्रदेशाच्या भुगोलीक रचणुकेक लागून तशें हांगचे सैमीन संपदेक लागून खूप आदीं सांवन ह्या प्रदेशाचें परदेशी पर्यटकांक आकर्शण आसलें. अरब, पुर्तुगीज, मालदीव, इंग्लीश आनी हेर देशांतले पर्यटक हांगा येताले.

कासरगोड हें केरळ राज्यांतलें एक प्रसिद्ध तिर्थस्थळ. हांगा हिंदू, किरिस्तांव आनी मुसलमान धर्मियांची मुखेल धार्मीक थळां आसात. बेकालसांवन ३० कि. मी. अंतराचेर आशिल्ले आनी ९ व्या शेकड्यांत बांदिल्लें अनंतपुरातलें देवूळ. हें केरळांतलें एकमेव अशें तळें देवूळ आसा. श्री महालिंगेश्वर हे शिवाचे देवूळ कासरगोडच्यान ४५ कि. मिटराचेर पायाश्विनी न्हंयचे दक्षीण देगेर आसा. कासर गोडच्यान ८ कि. मिटर अंतराचेर, मधुवाहिनी न्हंयलागीं आशिल्लें मधूर देवूळ तशेंच नामना जोडिल्लें धर्मस्थळ आसा. केरळी वास्तुशास्त्राची बांदावळ आशिल्लें कासरगोडच्या दक्षीण दर्यादेगे वयली

मलीक दिनार मशीद पर्यटकांची तशी भाविकांची एक खोशेली पवीत्र सुवात आसा. हाचेभायर हांगा चर्चीय आसात.

'थेय्यम' हें म्हाकाव्यां आमी पुराणांतल्या वीर व्यक्तिमत्त्वांचेर आधारीत नाट्य-सादरीकरण. यक्षगानांतले रायालो आनी बोम्मायर्झ्ट्र हे दोन प्रकार आनी पूरक्कली हो प्रेमदेवतेसंबंधी दिवाजांचेर सादर जावपी नाच - गायन नाट्य प्रकार. हे ह्या प्रदेशांतले खाशेले कला प्रकार आसून, ते भारतांत तशें भारता भायरय लोकप्रीय आसात.

एका पर्यटन थळ म्हणून कासरगोडची व्हड नामना आसा. सतराव्या शतमानांतलो, पांच एकर जमनिचेर पसरिल्लो किल्लो. चंदनगिरिचो व्हड चवकोनी किल्लो. वाटकुळे बुरूज आशिल्ले कन्हन गड - किल्लो, कन्नड साहित्याचो व्हड लेखक गोवींद पै हाचें स्मारक आशिल्लो मंजेश्वर, बरेच धबधबे आशिल्लो थोम्मानकुथु, इतिहासीक आनी भूगर्भीय म्हत्त्व आशिल्ली बकाल वेळ हीं कांय मुखेल पर्यटन थळां आसात. तेभायर योग साधना आनी आध्यात्मीक अभ्यासाखातीर जागतीक मान्यता प्राप्त जाल्लें आनंदाश्रम, सैमीक वनस्पतीखातीर म्हत्त्व मेळिल्लें रानीपुरम आनी पर्यटन निवास आशिल्ले वेलिया परंभा हीं ह्या वाठारांतलीं म्हत्त्वाचीं थळां आसात.

कासरगोडांत कांय नांवाक पाविल्ल्यो दर्यावेळो आसात. तातूंत पल्लीकेरे, कपील, कन्वातीर्थ, वालिया परंभा हांचो आस्पाव जाता. नित्यानंदाश्रम, आनंदाश्रम, एडनीर मठ कांचनजंगा, कोट्टाचेरी हील्स, चंद्रगिरी किल्लो, पोवाल किल्लो ही हांगची थळांय तितक्याच म्हत्त्वाचीं आसात.

- डॉ. जयवंत नायक

कासव : जमनीक घश्टत चलपी एक प्राणी. हो प्राणी कूर्म गणांतलो. (किलोनिया गणांतलो) कूर्म गणांत कासवांच्यो २५० जाती आसात.

कासव चडसो थंड जाग्याचेर दिश्टी पडटात. थोडे कासव जमनीर (टार्टोयिस) आसतात आनी बाकी सगळे (टर्टल) दर्यांत, बांयंत तळयेंत न्हंयेंत रावतात.

कुडिची रचना - कासवाच्या कुडिचे मुखेलपणान चार भाग आसतात. तकली, मान, धड आनी शेपूट.



ताचें पांय चार आसून ते धडाक दसिल्ल्याभशेन आसतात. जमनीर रावपी कासवाची बोटां वेगवेगळीं वा जुळील्लीं आसतात आनी ताचेर नाकटां आसतात. बांयंत रावपी कासवाची बोटां कातीन पातळ आसून जोडिल्ली आसतात आनी दर्यांत रावपी कासवाची बोटां वलयेसारखीं दिसतात. ताचें धड कट्ट्या पोंदा धापिल्लें आसता. संरक्षणाखातीर ताका तें उपेगी पडटा. कड्याच्या वयल्या भागाक 'पृष्ठवर्म' आनी सकयल्या भागाक 'अधरवर्म' म्हणटात. पृष्ठवणर्म साधारणपणान बाह्य फुगीर गोल आसता आनी अधरवर्म अंतरगोल आसता. कड्याचो भितरलो भाग अस्थिमय पट्ट्यांच्या तकट्याचो आसून

भायलो भाग शृंगी (शिंगाच्या द्रव्यासारखो) वरुथांचा (बाह्य खवळ्यांचो आनी तकटयाचो) आसता. चामड्यासारखे वा मोव कवच आसपी कासवांक वरुथ नासता. कूड दिसपी जाग्याच्या कातीक शृंगी खवळां आसतात.

ताची तकली खूब ल्हान आसता. कासवाक दांत नासतात, पूण जबड्यांच्या कडांचेर धारदार शृंगी पट्ट्यांचें आवरण आसता. कासव आपले तोंड भायर काडनासतना जीब भायर काडटात. दोळ्यांक तिसरी पापणी – निमेषक पटल – आसता.

सिस्टुयुडो वंशांत एक प्रकारची लैंगीक द्विरुपता (नर आनी मादी हांचो संरचनात्मक फरक) मेळटा. नराचे दोळे तांबडे आनी मादीचे तपकिरी आसतात. स्पर्श, रस आनी वास ह्या इंद्रियांचो बरो विकास जाल्लो दिश्टी पडटा. ताची मान चडशी लांब आनी मोव आसता.

कासवाचे तकलेसयत मान, पाय आनी शेपूट कट्ट्याभितर जाय तशें ओडून घेवंक मेळटा. उदकांत रावपी कासव उदकांतली वनस्पत, गोलगाय, शिपल्यो, नुस्तें, बारीक जीव खातात. जमनीर आसपी शाकाहारी आसता, पूण तेय बारीक – सारीक जीव खातात. तोंडांतलो धारदार शृंगी पट्ट्याचो उपयोग खातासतना जाता.

कासवांत दोन प्रकाराची श्वसनां आसता. तोंडांतल्यान घेवपी उदकांतल्यान ऑक्सिजनाचो ताका उपयोग करून घेवं येता. ताका लागून कितलोय वेळ तो उदकांत रावंक शकता. उदकांतल्या कासवाच्या अवस्करांत उगडपी दोन पिशव्यो आसतात. हो श्वसनाचो दुसरो प्रकार आसा. ह्या पिशव्यांच्या पातळ मित्तीत केशिकांचे जाळें आसता. ह्या अवस्कराच्या बुराकांतल्यान परत – परत उदक दिवन कासव त्यो पिशव्यो उदकान भरता आनी रिकाम्यो करता.

दर्यांतले कासव सोडून बाकी सगळे कासव शिंयांत शीतनिश्क्रियतेची (शिंया येवपी अर्धवट आनी पुराय गुंगिचे अवस्थेचो) आनी गरमेंत ग्रीश्मनिश्क्रियतेचो (गरमेंत येवपी अर्धवट आनी पुरायपणान न आसपी) अवस्था जगतात. ज्या जाग्यार शिंयाचो आनी गरमेचो त्रास जावचो ना त्या जाग्यार ते लिपून रावतात.

कासवाच्या प्रजोत्पादनाचो काळ थरावीक असो नासता. नर मादीपरस ल्हान आसता. ताचे अधरवर्म अवतल आशिल्ल्यान समागमाच्या वेळार ते मादीच्या फाटीर चेपून बसता. शिस्न अवस्कराच्या तळार आसता. मादी आपल्या फाटल्या पांयान जमनीर वा रेंवेंत फोण मारून तातूंन आपली तांतयां घालता. ताची तांतयां वाटकुळी वा लांब गोलाकार आसून ताचे कॅल्शियममय कट्टे घट्ट आसता, पूण दर्यांतल्या कासवाच्या तांतयांचे कट्टे चर्मपत्रासारखे वातड आनी ल्हव आसता.

जमनीर आसपी कासव चड तांतयां घालनात. दर्यांतल्या कासवाच्या तांतयांचो आंकडो व्हड आसता. २–३ म्हयन्यांनी तांतयांतल्यान पिलां भायर सरतात.

खूब काळासांवन लोक कासवाचे मांस आनी तांतयां खायत आयल्यात आनी आयजय ही प्रथा चालू आशिल्ली दिसता. कासवाच्या मांसाखातीर कासवांची बेसुमार हत्त्या करप जाता जाल्ल्यान, कासवांच्या प्रजातिंचेर नश्ट जावपाचें संकश्ट उप्रासलां. तेखातीर संसारभर कासवांक संरक्षण दिवपाक आनी तांचें संवर्धन करपाखातीर खाशेले कायदे केल्यात आनी संवर्धन केंद्रां उबारल्यांत. ह्या कायद्यांप्रमाण कासवांची हत्त्या करपाक मनाय आसा. तांची हत्त्या करतल्याचेर कायदेशीर कारवाय जावन दंड घालपाची तजवीज आसा. तशेंच कासवांक

आसरो दिवप, तांचें भलायकेची वेवस्था पळोवप, तांचें जनन क्रिया (तांतयां घालप आनी पिलां वाडोवप काळांत) अवस्थेंत तांकां मानवी आदार दिवप हाचो कायद्यांत आस्पाव आसा.

कासवाच्या कट्टच्यापसून वक्लाच्यो फ्रेमी आनी कांय सोबितकाय-प्रसाधनां तयार करतात. कासवाच्या चरबेपसून यंत्राक लागपी, बऱ्या प्रतिचे वंगण तेल तयार करतात. आदल्या काळांत भारतांत कासवाच्या काट्ट्याचें झुजाऱ्यांखातीर ढाली म्हणून वापर जातालो. बांय वा तळयेंतलो शेळो आनी हेर तरेची उदकांतली बुरशी कासवाचें खाण जाल्ल्यान, अशा उदकांत नितळसाण हाडपाखातीर थंय कासव सोडप जाता.

दशावतारांच्या दुसऱ्या अवतारांत विष्णून कासवाचे रुप घेतिल्लें. देव आनी दैत्यांच्या समुद्र मंथनांवेळार मंदार पर्वताक आदार दिवपाखातीर विष्णुंन हो कुरमावतार घेतिल्लो. ह्या अवतारांतले विष्णुंचें प्रतीक म्हणून हिंदुंच्या देवळांनी कासवाची आकृतिंतले चीत्र वा शिल्प दवरतात. नुस्तें मारपी लोक कासय (मादी कासव) पुजतात. नुस्तें मारताना कांसय तांच्या जाळ्यांत सांपडली तर तिची पुजा, अर्चा करून, तिका फूल-गंद करून पर्थून उदकांत सोडटात. दर्यांत वावुरपी नुस्तेकारांक ती संरक्षण दिता असो समज आसा.

– सं. मं.

कासार : पळयात : समाज कोंकणी

कासाळी : पळयात : आळूं

कांसाळें : आदीम काळासांवन प्रचलीत आशिल्लें एक घनवाद्य. ताका गोंयांतल्या कांय वाठारांनी 'कांसाळ' अशेंय म्हणटात. लोखंड, तांबें आनी हेर धातुंच्या भरसणीन कांशें तयार करतात. ते नाद निर्मणेखातीर हेर धातुंच्या मानान उजवें आसता, म्हण घांट, जघांट, कांसाळें असलीं वाद्यां करतना कांश्याचो वापर चड करतात. कांशें ह्या मिश्र धातुपसून तयार केल्ले दोन गोलाकार ताळ (दालीं) म्हळ्यार 'कांसाळें'. संस्कृतांत कांशाक 'कांस्य' म्हणटात. कांस्य + ताल = कांस्यताल – कोंकणींत कांशे + ताल = कांसाळ – कांसाळें अशें ताचें नामकरण जालां. ह्या वाद्याची उल्लेख संगीत रत्नाकर, संगीत समयसार, अशा पुर्विल्या ग्रंथांनी जाल्लो दिसता. कांशाच्या सुमार अर्ध सेंटिमिटर दाटायेचे १५ ते २० सेंटिमिटर व्यासाचे दोन गोलाकार कुडके घेवन तांच्या मध्यभागार बडोवन सुमार ४ सेंटिमिटर खोलायेचें चेप घालतात. कांय वाठारांत हींच मापां दिवन कांसाळें वताऱ्यांकडल्यान वोतून घेतात. चेप घाल्ल्या मध्यभागांतल्यान दोरी घालपाखातीर आरपार बुराक घालतात. त्या बुराकांतल्यान सुंभाची दोरी घालून, ताका गांठ मारून, लाकडाचे कुडके वा नाल्लाचो घट्ट काथो बांधतात. कांसाळें वाजयतल्याक ते लाकडाचे कुडके दोनूय हातांत धरून वाजोवप सोपें जाता. वाजोवपी दोनूय हातांतलीं दालीं एकमेकांचेर आपटिता आनी फाटी-फुडें आनी गोलाकार घासून वाजयता. ताकालागून कांसाळ्याचेर आघात जाल्लो निकटो नाद येना. पूण घांशिल्ल्या 'च्यकच्यै च्यकच्यैं' अशी आवाजाची निर्मणी जाता. ताकालागून कांसाळें हें एक तालवाद्य म्हण वापरतात.

कांसाळें गोंय आनी कोंकण तेचपरी उत्तर कॅनरा जिल्ल्यांत वापरतात. कांसाळें चड करून थळाव्या हेर

लोकवांद्यांच्या सांगाताक (घुमट, धोलकें, चौघुडो, डोब, ढोल, धूम, आराब) वाजता. सुंवारी, चौघुडो, पंचवाद्य, घुमटांवेली आरती, असल्या वादन प्रकारांत कांसाळ्याचो एक सहवाद्य म्हण आस्पाव जाल्लो आसता. कांय गायन आनी नाचाच्या कार्यावळींत तें निकटें एकोडें वाजता. गोंयच्या शिगमो नांवाच्या लोकोत्सवांत चौरंग, जत, आस्त, तळी, सकारत ह्या लोकगायन नाचांत ताल धरपाखातीर कांसाळें एकोडें वाजयतात. गोंयच्या दरेका देवळांतल्या वाजप – मेळांत (वाजत्र्यांमदीं) कांसाळें हें एक गरजेचें वाद्य म्हण ताची सुवात आसा. ताल धरपाक आनी वादनांत फावो ती रसनिर्मणी करपाक कांसाळें भोव



बरो सांगात दिता. कांसाळें वाजोवपी कसालाकाराची कळाशी वादन आयकतना मुजरत नदरेंत भरता. ताका लागून हालींच्या काळांत गोयांत जावपी लोकसंगिताच्या स्पर्धांमदीं कांसाळें वाजप्याक खास तसरिपो दितात.

केरळांतलें 'एळत्तालम्' आनी 'कुळित्तालम्' हीं कांशाचीं वाद्यां म्हळ्यार कांसाळ्याचेंच रुप. तांचो व्यास सुमार १२ ते १३ सेंटिमिटर आनी जाडी अर्धो सेंटिमिटर आसता.

– डॉ. पांडुरंग रा. फळदेसाय

काळींग : (मराठी – कलिंगड, संस्कृत – तरबुज, इंग्लीश – वॉटर मेलन, पोर्तुगेज – मॅलांशिया, लॅटीन – सिट्रुलस व्हलगॅरीस.)

एक फळ. ताची वाल जमनिचेर पातळून वाडटा. काळंगाचे एके वालीक २, ३ ते १५ मेरेन काळंगां लागतात. काळंगां आकारान वांटकुळीं वा लांबट वांटकुळीं आसतात. तांचो व्यास ५० सेंमी मेरेन आसता. काळंगाचे वालीक धवशीं फुलां फुलतात. सगळ्याच फुलांक काळींग जाता अशें ना. फुलांबरोबर जर 'तोरो' आसल्यार तो वाडटा आनी मागीर ताचें काळींग जाता. काळींग जून जावपाक सादारणपणान तीन म्हयने लागतात. काळींग जून जाला म्हणपाची खास अशीं लक्षणां आसनात. तरी आसतना काळींग जून जातकच जर ताचेर चिरपूट मारल्यार पोके वस्तीर चिरपूट मारतकी येता तसो आवाज येता. हाचें कारण काळींग पिकतकीर काळगांतल्या गराचें उदक सुकून तो विशविशींत जावन थंय पोकळी कशी निर्माण जाता. हाचें कारण देंठ काळगांत मुंगरता आनी फूल आसता तें फळाचे सकयलें पोंतय भितर वता.

काळंगांभितर तांबडो गर आसता. तन्न्या काळंगाच्या गराचो रंग धवसर आसता. हो गर जर गाड तांबडो आसत जाल्यार काळींग रूचीक बरें आसता, जर लेव आसत जाल्यार गोडयेक आनी रूचीक आसनात. काळंगांक चड बियो आसप, हें एक रूचीक काळंगाचें लक्षण. ह्यो बियो आकारान ल्हान, रंगान काळ्यो आनी चेपट्यो आसतात. एखाद्या काळंगांत धवसार बियो आसत जाल्यार तें काळींग तन्नें आशिल्ल्यान रूचीक बरें नासतलें अशें समजुचें. साहेबी, काळें, सुरई, कलमी, कबरा, चित्रा ह्यो काळंगांच्यो कांय जाती आसात. सालीचो रंग,

गरपाची रूच आनी फळांचो आकार हांचेवेल्यान ह्यो जाती वळखुपाक मेळटा.

काळंगाचे वाडीक गरजेची आशिल्ली रेंवट जमीन, भरपूर उदक आनी उश्ण तापमान कोंकणांत फाव तशें आशिल्ल्यान हांगा काळगांचें पीक भरपूर जाता. काळंगां रोवपाखातीर जमनींत एक ६–६ इंच खोल फोंड मारून तांतूंत ४–५ बियो रोयतात. सगळ्योच



काळींग फळ आनी शिरो

बियो किल्लून येनात. आयल्योच जाल्यार दोन रोपे दवरून बाकिचे हुमटावन उडोवपाचे आसतात. वेवस्थीत सारें आनी उदक दिलें जाल्यार, वालीची वेवस्थीत वाड जाता. काळंगाक 'मर' हो रोग जाता. हो रोग सगळ्या जातीच्या काळंगांमदीं दिसून येता. तो फ्युजेरियम (निव्हेयम) ह्या चित्याक लागून जाता. ह्या रोगाचो प्रसार बियांपासून जाता. ह्या रोगाक लागून काळंगांचे रोंप सुकून मरता. 'डिंकया' हो रोग मायकोस्फिरीला मेलॉनीस ह्या चित्याक लागून जाता. बीजदल आनी पानांचेर ह्या रोगान चितो पडटा. कांडाचे मदले कातिंतल्यान दिकासारको पदार्थ भायर सरूक लागता आनी अशेतरेन वाल मरता. 'करपा' हो रोग कोलेट्रॉट्रिकम लॅजेनिरियम ह्या चित्याक लागून जाता. ह्या रोगाची लागण जाल्यार पानांचेर आनी फळांचेर काळे दाग पडटात. हो रोग निवळावपाखातीर चितो मारपी वखद वापरतात. 'मावा' जातिच्यो किडी काळंगाक, म्हणजे फळांक तोपतात. देखून तांकां मारपाखातीर मॅलॅथिऑन वा फॉलिडॉलचे फवारे मारतात.

गोंयांत काळंगा सांताक्रुज, कळंगूट, म्हापशें, निर्ला, कोलव्यां, माजोर्ड्यां आनी बाणावले ह्या वाठारांनी चड प्रमाणांत रोयतात. गोंयांत काळंगां जानेवारी म्हयन्यांत रोयतात. पावसाळ्या मेरेन हें पीक घेतात. कारण फुलांचेर पावस पडत जाल्यार फुलां झडटात आनी वालीक फळ धरना. कांय वाठारांनी जून–जुलय म्हयन्यांतय काळंगा रोयतात. ताची वाल जमनिरच पातळावन वाडयतात. काळंगांचो गर गोड, थंड, तानेक बरो आनी उत्तेजक आसता. ह्या काळंगांपसून ज्यूस तयार करता. उपासाक काळंगांची शीर खातात. सत्यनारायणाचे पुजेक दोण्यांनी प्रसाद म्हूण काळंगांची फोड घालतात. वडा पुनवेकूय फळांच्या दोण्यांनी काळंगाची फोड घालतात. काळंगां खाल्यार मुतूंक साफ जाता. ताच्या बियांपसून काडिल्लें तेल खावपाक वा दिव्या खातीर वापरतात.

ह्यो काळंगांच्यो बियो पुश्टीक आसतात. हालिंसारां लोकांनी खाशेल्या अशा सुवाळ्याक खासा करून लग्न सुवाळ्याक बुफे पद्धतीन जेवण वाडपाची रीत आपणायल्या. हेवेळार हेर फळ भाज्यां वांगडा काळंगांपसून तांचेर कोरीव काम करून जेवणाच्या मेजाक सोबा हाडपाखातीर तशेंच जेवणाचो माहोल आनंदमय, तृप्त आनी फळमय करपाखातीर काळंगांचो वापर केल्लो दिश्टी पडटा. कोणेनय बरो धनसंचय केलो तर ताणें 'बरें काळींग केलां' अशी ओंपार कोंकणींत मारता.

– सं. मं.

काळी न्हंय : कर्नाटक प्रदेश आनी गोंय राज्य हांचे मदीं व्हांवपी एक न्हंय. हे न्हंयच्या उदकाचो रंग काळसर आशिल्ल्यान हिका 'काळी न्हंय' हें नांव पडलां आसूं येता. जोयडा तालुक्यांतल्या ९५१ मिटर उंचाये वयल्या पश्चीम घाटांतल्या 'डिग्गी' गांवांत काळी न्हंयचो उगम जाता. थंयच्यान घाटावयल्यान सकयल देवून १६१ कि. मी. व्हांवत येवन सदाशीवगड हांगा अरबी दर्याक येवन मेळल्या. काळी न्हंयचो अरबी दर्याक जंय संगम जाला त्या संगमाक तिर्थक्षेत्राचें रुप आयलां. लोक ह्या संगमाचेर धार्मीक विधी करून आत्मीक समाधान प्राप्त करता. पांडी, भरची, तप्रीहळ्ळी, काणेरी ह्यो काळी न्हंयच्यो उप न्हंयो आसून तांचो वापर ह्या प्रदेशांत शेतीखातीर जाता.

काळी न्हंयचे देगेर विंगड विंगड तरेची वनस्पत आसा. हातूंत वखदी वनस्पतय व्हड प्रमाणांत मेळटा. सोशे, साळी धरून घाटांत मेळपी सगळे तरेचीं जनावरां, पक्षी, जिवाणीं काळी न्हंयच्या परिसरांत आसात. न्हंयच्या उदकांत सगळे तरेचें सावें नुस्तें तशें दर्याचें नुस्तें, तिसऱ्यो, खुबे, कालवां, कोंगे हे शिल्पी नुस्तेंय हांगा मेळटा.

कर्नाटक विद्यूत निगमान तीन खंडांत विजेची निर्मिती केल्या. गणेश गुडी हांगा ९१० मॅगावेट कद्रा आनी काडेसळी हांगा २७० मॅगावेट आनी केळकाणेरी हांगा ११० मॅगावेट वीज निर्मिती जाता. देवबाग बीच, लव्हर्स पॉईंट, कद्राडॅम, काळी न्हंय बीच, सिंथेरी रॉक, कुळगी नॅचर कँप, व्हाईट वॉटर रिव्हर राफ्टर अशो जायत्यो प्रेक्षणीय सुवाती काळी न्हंयच्या वाठारांत आसात. कारवार शार हें हे न्हंयच्या कांठार वशिल्लें इतिहासीक म्हत्त्व आशिल्लें एक शार.

काळी न्हंयच्या वाटारांतल्या लोकांच्या जिवितांत काळी न्हंयक एक आगळी वेगळी सुवात आसा. हे न्हंयच्या उदकावरवीं शेती, नुस्तें, वीज-निर्मिती, रेंव - उत्पादन आनी हेर उद्योग - धंद्यांवरवीं हांगच्या लोकांच्या आर्थीक वेव्हारांत हें न्हंयचें व्हड योगदान आसा. तशेंच हे न्हंयचे भुगोलीक रचणुकेंतल्यान हांगच्या लोकांच्या सामाजीक तशें सांस्कृतीक जिविताक एक खाशेलो रुपकार मेळला. कारवार वाठारांत रावपी नामनेचे कोंकणी लेखक महाबळेश्वर सैल हाणें काळी न्हंयचे फांटभुंयेर हांगचे लोकजिवीत आनी समाज मन चितरायल्ली 'काळीगंगा' ही कादंबरी बरयल्या. ह्या वाठाराखातीर काळी न्हंय ही भारतांतले पवीत्र गंगेसारखी आसा असो तातुंतल्यान आशय प्रगट जाता. देवीदास कदम ह्या अनीक एका ह्या वाठारांतल्या कोंकणी लेखकान काळी न्हंयच्या परिसरांतल्या लोकजिविताचे फांटभुंयेर कांदबरी बरयल्यात.

– सं. मं.

काळें जिरे : पळयात : जिरे

काळोखे, गणपत पांडुरंग : (जल्म : १८८०, बिठ्ठोण, बारदेस).

मनशाचे भलायके संबंदी लिखाण करपी आदल्या काळांतलो गोंयकार लेखक.

ताणें मुळावें शिक्षण गोंयांत घेवन फुडले शिक्षण घेवंक तो मुंबय गेलो. थंय ताणें आयुर्वेदीक पद्धतिचें वैजकी शिक्षण दिवपी त्रिभुराम आयागल कॉलेजींत प्रवेश घेतलो. १९१० वर्साच्या सुमाराक तो हे कॉलेजिंतल्यान वैजकी शास्त्रांत पदवीधर जालो. उपरांत मुंबयत ताणें स्वतंत्र वैजकी वेवसायाक सुरवात केली. १९११ वर्सा सांवन ताणें वैजकी लिखाणाक सुरवात केली आनी 'अग्निमाद्य' (Dyspepsia) ह्या विशयाचेर १२५ पानांचें पयलें पुस्तक बरयलें. उपरांत १९३४ वर्सामेरेन ताणें भलायकेचेर आनीक १३ पुस्तकां बरयलीं, 'रोगजंतु', 'रोगोत्पादक प्राणी', 'अशक्त', 'क्षयरोग', 'फिरंगरोग', 'विद्यार्थ्यांचे आरोग्य', 'दातांचे आरोग्य', 'सार्वजनिक आरोग्य,' 'स्त्रियांचे आरोग्य' हीं ताच्या कांय पुस्तकांची नांवां आसात. 'विषमज्वर' ह्या ७०० पानांच्या आनी तीन विभागांत बरयल्ल्या पुस्तकांत ताणें विषमजोर आनी ताचेवयलो उपाय हाचेर पुराय माहिती दिल्या. ताचें सगळ्यांत म्हत्त्वाचें हें पुस्तक आसा.

– सं. मं.

किंजवडेकर, पं. वामनशास्त्री रामचंद्र: (जल्म : १८९०, पणशी – पेडणे – गोंय, मरण : १६ ऑक्टोबर १९३९ मिरज).

एक वैदीक पंडित. ल्हान पिरायेंतच ताची आवय – बापूय संवसार सोडून गेल्ल्यान ताचें ल्हानपण त्रासांत गेलें. पिरायेच्या २३ व्या वर्सामेरेन व्याकरण, न्याय आनी वेदान्तशास्त्रांत ताणें विशेश प्राविण्य जोडलें.

किंजवडेकाराचें मीमांसा शास्त्राचे तत्वतः आनी पुराय रितीन पुनरुज्जीवन करप हेंच ध्येय आसलें. यक्षगानाविशीं पुराय माहिती घेवपाखातीर नागपूर हांगा १९१५ वर्सा सोमयाग आनी १९३४ वर्सा कुरुंदवाड हांगा आप्तोर्यामयाग ताणें केले. ह्या यागांत ताचो व्हडलो भाव यजमान आसलो.

मीमांसाचेर ताणें कितलिशींच पुस्तकां बरोवन ती संपादीक केलीं. 'आधान पद्धती', 'पश्चालंभनमीमांसा', 'आप्तोर्यामयाग,' 'संस्कार मीमांसा' ही ताची कांय महत्वाची पुस्तकां आसली.

१९२४ वर्सा, पं. वामनशास्त्रीच्या सहकार्यान पुण्याच्या शिक्षण प्रसारक मंडळान मीमांसा विद्यालयाची स्थापन केली. ताचें पयली ताणें न्यू पूना कॉलेजींत (आताचे सर परशुरामभाऊ) शिकयलें. त्या काळांत फर्ग्युसन महाविद्यालयात म. म. वासुदेवशास्त्री अभ्यंकर, तर सर परशुरामभाऊ कॉलेजींत पंडित वामनशास्त्री किंजवडेकर संस्कृत भाशेंतले ग्रंथ शिकयताले. पुराय महाराष्ट्र भोंवन वामनशास्त्रीन विद्यालयाची बिल्डींग, ग्रंथशाळा हाचेखातीर पैसो एकठांय केलो आनी अग्निहोत्राची व्यवस्था कायम उरची हाचेखातीर आर्थीक मजत केली.

मीमांसा शास्त्राच्या आदारान, पारंपारीक पद्धतीन हिंदू धर्मशास्त्रांतल्या प्रश्नांचे आकलन करपाखातीर मीमांसा विद्यालयाच्या पुढाकारान विद्वतपरिषदूय

स्थापन केलें. तांतूत वासुदेवशास्त्री अभ्यंकर अध्यक्ष आसले. अग्निहोत्र चलोवपाखातीर आवश्यक अशें तशेंच मीमांसा शास्त्राच्या अध्यनाक गरजेची अशी पुस्तकां ताणें बरोवन आनंदाश्रमाच्या मदतीन छापली. हे सगळ्याक मान्य जावपाखातीर वामनशास्त्रीन 'केसरी' ह्या नेमाळ्यांतल्यान कांय लेख बरयले. विद्यालयान हिंदी भाशांतरय छापून उजवाडाक हाडलां. ताच्या कारकिर्दीक यश मेळिल्ल्यान मुंबयच्या विद्यापीठान मीमांसा शास्त्र हो विशय एम. ए. खातीर सुरू केलो. पूण अभ्यासाखातीर कुमारिल भट्टांचे 'तंत्र वार्तिक' हो ग्रंथ दुर्मीळ आसल्यान तो ग्रंथ संपादून हाडपाखातीर वामनशास्त्रीन थारायलें, पूण मीमांसा विद्यालयाखातीर आर्थीक मदत एकठांय करपाखातीर वामनशास्त्रीक भोंवचें पडलें म्हण ताणें हें काम पं. सुब्बावधानीशास्त्री हांचेकडेन सोपयलें. ह्या कामाक ताका वामनशास्त्री मार्गदर्शन दिताले. प्रकाशनाची व्यवस्था नाशिल्ल्यान वामनशास्त्रीच्या सांगणेवेल्यान सगळे ग्रंथ आनंदाश्रमान उजवाडाक हाडले.

वामनशास्त्रीन विद्यालयांत मीमांसा शास्त्र, संस्कृत भाशेचें अध्ययन – अध्यापन हाचेंखातीर सोय केली. १९३४ वर्सापसून विद्यालयाक केंद्र म्हण मान्यता मेळली आनी दिसानदीस विद्यार्थी वाडत गेले. पयसुल्या गांवातल्यान विद्यार्थी परिक्षेखातीर येताले. मीमांसा शिकयताना तांकां देश–विदेशांतले शिश्य मेळटाले. तातुंतले एफ्. एजर्टन आनी बी. ब्रेलोर हे मुखार आसले.

वामनशास्त्रीन आपल्या खर्चान 'मीमांसा प्रकार' अश्यो पत्रिका काडल्यो, पूण त्यो मदींच बंद पडल्यो. तशेंच मीमांसाविशयाची पुस्तकां प्रकाशीत करपाखातीर ताणें स्वताची अशी प्रकाशन संस्था उबारली. पूण २–४ पुस्तकां काडले उप्रांत ती बंद जाली. अखिल भारतीय संस्कृत विद्यापीठ जावचे त्या खातीर लाहोरांतल्या पं. भंडारी हांचेकडल्यान समाजाचो पुरेपूर हातभार लागचो, असो यत्न ताणें केलो. थोर मीमांसक आनी बंगलोर संस्कृत कॉलेजीचें पंडित वैद्यनाथशास्त्री हांचेकडेन पूर्वमीमांसेचे पुराय अध्यन करून मीमांसक शिरोमणि आनी सरस्वती भूशण अश्यो पदव्यो जोडल्यो. मिरज हांगा उपचार घेतांनां ताका मरण आयलें.

– सं. मं.

किंजवडेकार, श्रीपादशास्त्री दत्तात्रेय : (जल्म – १७ ऑगस्ट १९१८ पणशी, पेडणे – गोंय, मरण – २० ऑक्टोबर १९७७).

एक संस्कृत पंडित. सावंतवाडी हांगा आपले पाठ्यशाळेचें शिक्षण घेतगीर पुण्यातल्या बापोलयाकडेन म्हळ्यार मीमांसा शिरोमणि वामनशास्त्री किंजवडेकार हाच्या मीमांसा विद्यालयांत शिक्षण घेवपाखातीर गेलो. थंय ताणें 'मीमासातीर्थ' ही पदवी मेळयली. ताचे उपरांत १९३६–१९४२ मेरेन ताणें मुंबयच्या राम–नारायण रुईया महाविद्यालयांत संस्कृत अध्यापनाचें काम केलें. उपरांत ताणें भारतीय वेदविद्या, हिंदू धर्माचो प्रचार आनी प्रसार हांचेर लक्ष दिवन पुराय भारतभर ह्या विशयावेली व्याख्यानां दिलीं.

१९६३ वर्सा, तो पुण्याक स्थायीक जालो आनी स्वताची ईशावस्य प्रकाशन संस्था सुरू केली तशेंच हिंदू धर्मांतली पुस्तकां प्रकाशीत करपाक सुरवात केली. हातुंतले विशय व्याख्यानांतल्यान पयलेच मांडिल्ले आसले. गायत्री – विज्ञान आनी

उपासना, भक्तिच्या वाटा, सदार्थदिपिका, श्रीनृसिंह सरस्वती हांचे चरित्र आनी कार्य, स्मरण चातुर्मास, श्री अक्कलकोटनिवासी स्वामी समर्थ हांचे चरित्र आनी कार्य, लघुसिद्धान्तकौमुदी भाग – १ संपादीत मराठी आवृत्ती, श्री टेंबेस्वामी महाराज हाचें चरित्र अशी कितलिशींच पुस्तकां ताणें आपल्या संस्थेवतीन प्रकाशीत केली. भक्तितल्या 'वाटा' आनी 'भक्तिरसनवनीत' अशा पुस्तकांत प्राचीन भक्तिसुत्रांपासून भागवत संप्रदाय् मेरेन संगळी म्हायती दिल्या. भक्ति रसपूर्ण स्त्रोत्रेय आसात. 'स्मरण चातुर्मास' आनी 'संपूर्ण चातुर्मास' हातून चातुर्मासांत लागपी देवधर्माच्यो सगळ्यो विधी, आरत्यो, काणयो, नित्यपाठाखातीर लागपी श्लोक, सोप्पी स्तोत्रां हांचो समावेश आसा. हिंदू धर्माचो प्रचार आनी प्रसार करपाचो ध्येय आशिल्ल्यान गांवांगांवांत वचप, थंय व्याख्यानां दिवप, थंयच्या खबरापत्रांत लेख बरोवप, अशा जनसंपर्क साधपी उपक्रमांतल्यान ताणें लोकांक हिंदू धर्माची महती सांगून लोकांक ते संबंधी शिक्षीत केले. ह्या उपक्रमाखातीर ताणें भराता भायर इंग्लंड, फ्रान्स, जर्मनी ह्या देशांतय व्याख्यानां दिलीं. १९६८ वर्सा मुंबयच्या मंडळाच्या सांगणेवेल्यान ताणें एक योगानुशासन केंद्र उबें केलें. हातून शास्त्र शुद्ध योगाचे शिक्षण दिवपाची योजना आसली. १९५० च्या काळांत किंजवडेकारान 'वसुधा' नांवाचे साताळें सुरू केल्लें पूण तें मदींच बंद पडलें. नर्मदा लागसारच आशिल्ल्या विंध्य पर्वताच्या सान्निध्यांत ताणें खुपदां गायत्री पुनश्चरणां केलीं. तशेंच थंय निवासी योग मार्गदर्शन शिबीर घेतलें. कर्नाटकांतल्या श्रीक्षेत्र वरदहल्ली हांगासल्ल्या श्रीधर स्वामीं महाराजांची श्रीपाद शास्त्रींचेर कृपा आसली. नामनेचो नाथ पंतीय योगी श्री गगनगिरी महाराज हांकां मेळिल्ल्यान नाथ संप्रदायांतल्यो कितल्योश्योच विभुती आनी तांच्या कार्याचो ताका परिच्य जाल्लो. भारतीय धर्माचो प्रचार आनी प्रसार करप, व्याख्यानां दिवप, वैयक्तीक मार्गदर्शन करप अशा कितल्याश्याच उपक्रमांनी जनमानसाक हिंदू धर्माबद्दलची आवड आनी जागृती निर्माण करपाचें इतिहासीक काम किंजवडेकारान केलें.

– सं. मं.

किचुंदर : पळयात – चिचुंदर

किणी, अन्नपुर्णा एस्. (डॉ.) : (जल्म ११ डिसेंबर १९६६ बोळुवार – पुत्तूर – दक्षीण कर्नाटक)

तिच्या बापायचें नांव नामदेव प्रभु आनी आवयचें पुष्पलता. तिका डॉ. अशोक आनी राधेश अशे दोन भाव आसात. तिचें प्राथमीक शिक्षण सँट विक्टर आंग्ल माध्यम स्कुलांत आनी माध्यमीक शिक्षण सरकारी ज्युनियर कॉलेजांत जालें. एस्. एस्. एल्. सी. परिक्षेंत सबंध पुत्तूर तालुक्यांत ती पयल्या क्रमांकार आयली. विवेकानंद कॉलेजींत पी. यू. सी. चें शिकप जाले उप्रांत कोडियालांतले के. एम्. सी. मेडिकल कॉलेजिंतल्यान एम्. बी. बी. एस्. पयल्या क्रमांकान आनी भांगरापदाचो मान घेवन केली. तशेंच थंयची अभ्यासक्रम सोंपयताना 'बेस्ट ऑफ गोयींग स्टुडंट' हो मान प्राप्त केलो.

१९९० त तिचें डॉ. सुभाष किणी हाचेकडेन लग्न जालें. तिका अक्षय आनी समीर अशीं दोन भुरगीं

आसात. अन्नपुर्णान लंडनाक वचून एम्. आर. सी. पी. पदवी प्राप्त केली. काळजा – पिडेचेर संशोधन केले, उप्रांत तिका लंडनच्या रॉयल कॉलेज ऑफ फिसिशियन संस्थेन आपलें वांगडीपण दिलें. १९९६ त न्युयॉर्काच्या मौंट सिनाय वचून काळजा पिडे तज्ञ डॉ. वालेंटीन फस्टर आनी डॉ. समिन शर्मा हांचेकडेन ह्या विशयाचेर प्रशिक्षण घेतलें. न्युयॉर्काचे मौंट सिनाय मेडिकल सेंटरांत तिणें हार्टक्याथल्याब हे संस्थेची सहाय्यक संचालक म्हणून काम केला. उप्रांत तिणें इंटरनॅशन कार्डियोलॉजी फेलोशीप प्रोग्रामाची (काळजाचे पिडेसंबंधी अध्ययन शिश्यवृत्ती येवजण) संचालक म्हणून जापसालकी घेतली. काळजा – पिडे संबंधिच्या संशोधनाचेर परिसंवादांनी पेपर सादर करप, वैजकी नियतकालिकांनी आनी पुस्तकांनी लेख बरोवप, जाणकारांमदीं विचार – विनिमय करप, अशें तिणें सातत्यान चालू दवरलां. न्युयॉर्काचे मौंट सिनाय मेडिकल सेंटरांत तिणें एक हजारावयर एंजियोप्लास्टीक शस्त्रक्रिया केल्यात. तिच्या ह्या कामाचो गौरव म्हणून मूळ भारतीय वंशाचे अमेरिकेंत स्थायीक जाल्ल्यांनी चलयल्ल्या काळजा–पिडा संघटनेन तिका युवा संशोधक पुरस्कार दिवन सन्मानीत केल्या. अमेरिका सारकिल्या देशांत अमेरिके भायले व्यक्तीक अशी संद आनी असो मान सन्मान मेळोवपी अन्नपुर्णा ही एक कोंकणी बायल मनीस आसा.

– डॉ. जयवंत नायक

कित्तो : अक्षर सुदारपाची अक्षर – पटी. आदल्या काळांत अक्षर नितळ, सुंदर आनी भाशीक नदरेन शास्त्रशुद्ध आसपाची बरयतल्याकडसून अपेक्षा



कन्नड अक्षर



नागरी अक्षर

दवरताले. सुंदर अक्षरां बरोवपाची संवकळ आनी सराव करपाचे उद्देशान, आदल्या काळांत प्राथमीक विद्यार्थ्यांखातीर अक्षरां गिरोवपाची वेवस्था आशिल्ली अक्षरपटी आसली. ही अक्षरपटी म्हणजे एक तरेचें पाठ्य पुस्तक (Text - book) समजताले. ह्या कित्त्यांत पयले वळीर, सुंदर रितीन काडिल्लीं मोठ्या आकाराचीं अक्षर–माळ आसताली. ताचें सकयल दुसरे वळीर वयले वळिंतलींच अक्षरां टींब–टिंबांनी दाखयताले. अक्षर सुदारतल्यान हे दुसरे वळिंवयलीं अक्षरां टिंबाक – टींब दसोवन गिरोवंची आसतालीं. उप्रांत तिसरी वळ मेकळी आसताली आनी बरयतल्यान तिचेर कसलोच आधार घेनासताना पयले वळिवयल्या अक्षरां सारखीं सुंदर अक्षरां काडपाचो सराव करचो आसतालो. दिसपट्टो असो सराव करपाचो तेन्ना शाळेंत एक वर्ग – वेळ (Period) आसतालो. वर्सुकी परिक्षेच्या वेळार कित्त्या वयलीं अक्षरां गिरोवपाचे मार्क जमेक धरताले. शाळेंत कित्तो गिरवपाच्यो एक खाशेली पद्दत आसली. दोनय पांय दावेवटेन दोडून (दाव्यार – उजवो पांय) विद्यार्थ्यांनं बसप. दोडिल्ल्या उजव्या पांयार कित्तो दवरप. उजव्या हातांत बोरू (बारीक कोंड्याची वा मोठ्या तणक तणाची म्हणजे बोरूची केल्ली लिखणी) धरून कित्यावयलीं अक्षरां गिरोवपाचीं आसतालीं. आदल्या काळांत असल्यो लिखणी घरच्या घरा करताले आनी त्यो दौतिंतल्या तितांत (शाय) बुडोवन बरयताले.

सुंदर अक्षर ही अक्षराच्या स्वतंत्र आस्तित्वाची कल्पना फाटीं पडून अक्षर, हें गिन्यानाच्या प्रकटिकरणाचें माध्यम ही कल्पना मुखार येयत सांवन कित्त्यावयलें गिरोवपय फाटीं पडलें. आतां तर बरोवप म्हटल्यार संगणकाचेर टायप करप अशें जाल्ल्यान, अक्षर – सुधारणा ही संकल्पना फाटीं पडल्या. अशें आसलें तरी सुंदर अक्षर काडूंक योवप हें आजूय खाशेलेंपण मानपी कांय लोक आसात. पूण तें सुदारपाची वेवस्था आतांच्या शाळांनी दवरूंक ना.

– सं. मं.

किरकिरो (King fisher) : एक मध्यम आकाराचें सुकणें. मराठी नांव 'खंड्या' आनी धीवर. हिंदी नांव 'किलकिलो.' करास पिफार्मिस गणांत अल्सेडिनिडे कुटुंबांतलें हें सुकणें. इंग्लिशींत हाका 'किंगफिशर' म्हणटात. हो पक्षी नुस्तें धरपाक चलाख आशिल्ल्यान ताका हें नांव पडलां आसूं येता.

नुस्तें धरपाचें प्रक्रियेवेळार हो पक्षी 'किरकिर' असो कर्कश आवाज करता ताचेवेल्यान ताका किरकिरो हें नांव पडला. ह्या पक्षाच्यो सुमार ८५ जाती आसात. मध्यम आकाराच्या ह्या पक्षाची कूड घट्ट आसून ताका ल्हान गळो आनी लांब, टणक हळुडुवी–तांबडी चोंच आसता. तांचो रंग चडसो पाचवो वा निळो आसता.

पूण कांय किरकिरे धवे, आनी तांबडेय आसता. कांय किरकिरे मिश्र रंगाचेय आसता.

किरकिऱ्यांचो दोन मुखेल वर्ग आसात. एक अलसेडिनिने आनी दुसरी आसिलो सिनीय. पयल्या वर्गांतले किरकिरे व्हाळ, तळीं, न्हयच्यां देगेर रावतात. उदकालागीं झाडाचे फांदयेर बसून, उदकांतल्या नुस्त्यांक तेळटा आनी संद मेळटाच दर्यांत उडी मारून नुस्त्यांक धरून वयर सरतात आनी मागीर हवेंतल्या हवेंत वा झाडार येवन धरिल्लें नुस्तें खातात. हांची नुस्तें धरपाची खाशेली कळाशी आसा. उदकांतल्या नुस्त्यांचो अदमास घेवपाक हे उदकावयर सुमार ८–१० मिटर एकेच सुवातेर थीर अवस्थेंत पाखां हालोवन थंयच्या थंय रावता. तशें करताना ताची अवतिकाय एकाच जाग्यार राविल्ल्या हॅलीकॉप्टरासारखी दिसता आनी नुस्त्याचो वेध घेवपाचो जाता तेन्ना बाण कसो हो पक्षी चोंच सकयल करून उदकांतल्या नुस्त्याचेर तीर धरून, चोचिंतल्यान नुस्त्याक धरता आनी तेच गतीन पर्थून वयर मुसंडी मारता.

दुसऱ्या वर्गातले किरकिरे रानांत रावता आनी किडी, बेबे, ल्हान सुकणीं खावन जगता.

किरकिरे उदक आशिल्ल्या वाठारां लागीं मातयेंत बीळ काडून रावता. मादी एके फावट ५ ते ८ तांतयां घालता. जल्मावेळार पिलाचे दोळे उक्ते जायना. तीन–चार वरां उप्रांत पिलां बिळाभायर सरतात. ल्हान आसताना पिलांक नर आनी मादी दोगांय अन्न भरयतात.

कमर्शियल वेव्हारांत ह्या पक्षाचें नांव दोन आस्थापनांवरवीं लोकांच्या तोंडार उरलां. कोंकणी उद्योजक वियज मल्ल्या हाणें आपल्या सोऱ्याच्या उद्योगांतल्या बीयर ह्या एका पेयाक 'कींग फिशर' नांव दिला. तशेंच ताणें आपणाल्या विमान येरादारिचे विमान सेवेक 'किंगफिशर एअरलाईन्स' हें नांव दिलां, आनी दोनय उद्योगांची उद्योग कुरू म्हणून किरकिऱ्याचें चीत्र दाखयलां.

– सं. मं.

किरट : दुसऱ्याचें रगत पिवून दुसऱ्याच्या जिवार जियेवपी एक जीव. मनीस, जनावरां, पक्षी आनी सरपटपी प्राण्यांच्या आंगार ती जियेता. आथ्रोपोडा संघाच्या ॲरकिनडा वर्गांत तिचो आस्पाव जावन ॲकॅरिना हो तिचो उपवर्ग. घट किरटी (आयक्झोडिडी कूळ) आनी मोव किरटी (ॲरगॉसिडी कूळ) अशे दोन प्रकार आसात. तेभायर तिच्यो हेर शेंकड्यांनी जाती संवसारांतल्या सगळ्या वाठारांनी सांपडटात.

किरटीक वयलेवटेन (तोंडाकडेन) आठ पांय आसतात. तिचे कुडिची तकली, छाती आनी पोट हांचे मदीं स्पश्ट विभाजन आसनाशिल्ल्यान तिची सबंध कूड म्हणजे चण्याचे एके दाबीसारखी आसता. तिचे दांत फाटले वटेन वळिल्ले आसतात आनी तातुंतल्यान ती रगत ओडूंक शकता. किरट जेन्ना कोणाकूय चाबता तेन्ना तिचे अशे तरेन दांत रोमतात, की ते काडूंक कठीण जाता. थंयचें रगत पिवन किरट फुगतकच मागीर ती आपशींच सुटता. मादी किरटिचो आकार नरापरस व्हड आसता.

मादी किरट जमनीर वा तणांत तांतयां घालता. उपरांत हीं तांतयां फुटून स पांयांच्यो किडी भायर येतात. तांचे योग्य वेळार निर्मोचन (कात उडोवपाची क्रिया) जावन आठ पांयांचें अर्भक तयार जाता. फुडें अर्भकाचें परत निर्मोचन जावन पुराय किरट तयार जाता. कांय जातींत तांची पुराय जीण एकाच जिवाचेर (जाचेर किरट आपली जीण काडटा) सारता, जाल्यार

कांय जातिच्यो किरटीत आपली जीण निर्मोचना उपरांत वेगवेगळ्या जिवांचेर सारतात. पुराय वाड जाल्ल्यो किरटी केन्ना–केन्नाय अन्नाबगर बरोच काळ जगूंक शकतात.

आयक्झोडिडी कुळांतल्या किरटिचो (घट किट्टी) त्रास मनशांक आनी पोशिल्ल्या जनावरांक जाता. 'डरमॅसेंटर व्हेन्यूस्टस' हे किरटींपसून मनशांक 'रॉकी माऊंट' थिपक्यांचो जोर येता. अमेरिकेंतल्या रॉकी नांवाच्या दोंगराळ वाठारांत पयलेच खेप दिशिल्लो आनी थिपक्यांभशेन फोड येवपाचें लक्षण आशिल्लो जोर) 'डरमॅसेंटर रेटिक्युलेटस' हे किरटींपसून सुण्यांक हेमॅटोझूनाची लागण जावन ताका पित्तज्वर जाता. असोच रोग दक्षीण आफ्रिकेंत 'हीमोफायसॅलिस लिची' हे किट्टीपसून जाता.

'मॉरगॅरोपस ॲन्यूलेटस' हे किट्टीपसून जनावरांक रक्तमूत्र हो रोग जाता. अर्गॅसिडी कुळांतल्या 'आर्निथोडोरस मौबेटा' हे जातीचे 'स्पायरोकिटी' ह्या किरटींपसून मनशाक परत परत जोर येता. 'मॅकिसको आनी टेक्सस' ह्या वाठारांत 'ऑर्निथोडोरस ट्युरिकेटा' हे जातीचे किरटीपसून मनशांक, कुकडांक त्रास जाता. 'अर्गस मिनीएटस' हे जातिंतल्या 'स्पायरोकिटी' हे किरटींपसून कुकडांक 'स्पायरिलोसिस' हो रोग जाता.

किरट हो जीव मनीस धरून सगळ्याच जिवांच्या आंगार जियेता आसलो, तरी नितळसाण दवरी नाशिल्ल्या जिवांचेर तिचो चड राबितो उरता. पाळीव जिवांमदीं सुकणीं वा माजरां सारक्या नितळसाण बाळगुपी जिवांपरस सुण्यांसारक्या नितळसाण बाळगिनाशिल्ल्या जिवांमदीं किरटिंचें प्रमाण चड आसता.

ह्या जिवांक आळाबंदा हाडपाक ५० टक्के गॅमेकिझन पिठो मारतात. तेचपरी मॅलॅथिऑन वा रोनेल ह्या कीटक नाशकांचो उपेग करतात.

– सं. मं.

किराता कड्डी : पळयात : किरायतें

किरायतें (किराता कड्डी) : (मराठी– ओली किर्यत, हिंदी – किर्यात, गुजराती – लिलम कुर्यातु, कन्नड – नेलबेवू गिड, संस्कृत – भूनिंबू, इंग्लीश – क्रिट, लॅटीन – अँड्रोग्राफिस पॅनिक्युलॅटा.)

ही एक वखदी वनस्पत. ती सुमार १.५ मी. वाडटा. तिचीं पानां एकामेकासामकार, देंव नाशिल्लीं आनी मुळाकडेन मात्शीं व्हड आसतात. सुमार १ सेंमी. लांबायेची, लेव पाचवीं आनी तांचेर जांबळीं फुलां येतात. दरेक पाकळेच्या मुळाक पाचवीं प्रपिंडाची जोडी आसता. पाकळेच्या तळाक तेंकून चार ते पांच केसरदलां आसतात. किरायत्याक १.५ ते २ सेंमी. लांब, बोंडां आसतात. हीं बोंडां फुटून ताचीं दोन अर्दीं जातात. तातूंत बारीक, खूब बियो आसतात. दोंगराळ वाठारांत किरायत्याच्या कुळांतल्यो जांयत्यो जाती दिश्टी पडटात. किरायत्याची रूच कोडू आसता.

ही वनस्पत चड करून पोरसांनीं लायतात.

फुलां येतकच ही वनस्पत एकठांय करून सुकयतात. सुकयल्लें किरायतें वखद म्हूण वापरतात. किरायतें भूक वाडोवपी, जोराचो नाश करपी, पुश्टीक आनी कृमीनाशक आसता. दिसाचो जोर (typhoid) वा मोडशी जातकच अशक्त जाल्ल्या वायटकाराक थंडसाण मेळूंक किरायतें दितात. अजीर्ण जाल्यार वा पोटांत दंत जाल्यार पेरिच्या झाडाच्यो कोमच्यो आनी

किरायतें शिजोवन तयार केल्लो काडो पोटांत घेतात. हे वनस्पतिचो वखदी उपेग करताना जाणकारांची जाणवाय घेवची.

– सं. मं.

किरिस्तांव समाज : पळयात – समाज (कोंकणी)

क्रिज्म (Crisma) : किरिस्तांव धर्मांतलो एक संस्कार. भुरग्याक (चलो आनी चली) सात वर्सां सोंपतकीर, गांवचे इगर्जेंत व्हरून बिस्मा (bishop) कडल्यान क्रिज्म दिता. क्रिज्माच्या संस्कारा दिसा भुरग्याक धवो भेस न्हेसयतात. इगर्जेंत बिस्म भुरग्याच्या माथ्यार पवित्र उदक (आजमेंत) शिंपडयता आनी कपलार खुरसाची कुर करता. क्रिज्म संस्कारावरवीं भुरग्याक पवित्र आत्म्याचो आशिर्वाद मेळून ताका विवेक, गिन्यान, बुद्ध, बळ, दया आनी शक्त प्राप्त जाता अशें मानतात.

हो संस्कार बिस्म गांवांतले इगर्जेंत आयिल्लेकडेन करचो जाल्ल्यान, जेन्ना बिस्म इगर्जेंत येता तेन्ना सात वर्सां पुराय केल्ल्या गांवच्या सगळ्या भुरग्यांक एका बराबर क्रिज्म दितात. बारा वर्सांपुराय जावचेंपयलीं क्रिज्म दिवप जावंक जाय असो संकेत आसा.

क्रिज्म (Crism) हें पुर्तुगीज उतर. हाचो अर्थ थिरावणी असो जाता. हो संस्कार करून घेतिल्ल्या भुरग्याच्या फुडाराच्या जिविताची धार्मीक तशी आध्यात्मीक नदरेन थिरावणी करून ताका फुडल्या जिविताखातीर सक्षम करता असो ताच्या फाटलो भावार्थ दिसता.

– सं. मं.

किल्ल (Dendrocalamus strictus) : कणक वा वेळू ह्या कोंड्या प्रकाराचे कोंब. पावसाळ्यांत ह्या कोंड्याच्या मुळांत कोंब येतात. हे कोंब म्हणजे खरेंपणी ह्या कोंड्याक फुटिल्ले फांटे (रोंपें). हे कोंब भाजी करपाखातीर वापरतात. हें कोंब तरनें आसतनाच काडटात. ताच्यो वयल्यो साली काडून भितरलो मोव गर काडून घेतात. ह्या



मोव गराच्यो फोडी करून आनी तातूंत मिरसांग, मीठ, सोय आनी हेर मसालो घालून भाजी करतात. ही भाजी जशी रुचीक आसता तशी तिच्यांत वैजकी गुणूय आसता. किल्लाचे फोडिंचे लोणचेंय करतात.

रानटी कोंड्याचो एक प्रकार आसता ताका चिवार (oxytenanthara ritcheyi) म्हणटात. हाचेय कोंबाचो खावपाखातीर वापर करतात.

किल्ल हो कोंड्याचो कोंब आशिल्ल्यान ताका कातरून काडपांतल्यान कोंड्याचें नवनिर्मितीक बाधा येता आशिल्ल्यान किल्ल काडपाचेर कायदेशीर बंदी आसा.

– सं. मं.

किल्लाचें लोणचें : साहित्य – १ किल्ल, १ व्हडलें चमचो मिरसांगाचो पिठो, १ धाकटें कुलेर (चमचो) हळडिचो पिठो, अर्द कुलेर मिरयो पिठो, वासापुरतो हींग, ४ लिंबाचो रोस.

रीत : आदल्या दिसा किल्ल बारीक शिनचो आनी भिजत घालचो. दुसऱ्या दिसात तो पिळून काडचो आनी मीठ लावन दिसभर चेपणाक दवरचो.

सांजवेळा लोणचें करतना मिरसांगाचो, हळडिचो, हिंगाचो पिठो, थोडें मीठ, मिरयां पिठो आनी लिंबाचो रोस हें सगळें किल्लांत घालून बरें चाळचें आनी लोणचें बरणेंत भरून दवरचें.

अशेंच साहित्य वापरून चेपणां घाल्ल्या बिमलांचे, गाजराचें, फ्लावराचें, हरव्या मिरसांगांचेंय करपाक मेळटा.

– **सं. मं.**

किल्लो दिरू : पळयता : घोडुक

किस्मूर : खाणाचो एक प्रकार. कोंकणांत मांसाहारी आनी शाकाहारी अशो दोन तरेच्यो किस्मुरी करतात. सुक्या (खाऱ्या) नुस्त्याचे मोवले घालून करता ती मांसाहारी आनी पापड वा वडयो घालून करता ती शाकाहारी किस्मूर आसता. एक प्रकार म्हणून शाकाहारी किस्मूर करता आसले तरी मांसाहारी किस्मुरच लोकप्रीय किस्मूर आसा.

मांसाहारी किस्मूर करपाची रीत : एक कांदो बारीक शिनचो आनी चमचो भर तेल घालून कायलींत तळसुचो. मागीर तातूंत अर्द चमचो हळडी पिठो, अर्द चमचो मिरसांगा पिठो आनी वाटीभर नाल्लाची सोय घालून, मंद उज्यार पांच मिनटां भर धवळून काडचो. तातूंत मागीर सुक्या बांगड्याचे (कांटे काडून) मोवले वा सुक्या सुंगटाचे मोवले, बारीक कुडके करून घालचे आनी चमचोभर खोबरेल तेल घालून, पर्थून सगळें मिश्रण मोवले कडक जायसर तळसुचे. रुची पुरतें मीठ घालचें.

शाकाहारी किस्मूर : पांच भाजिल्ल्या पापडांचे कुडके वा वाटीभर धाडायल्ल्या वोड्यांचे कुडके तेलांत तळून घेवचें. मागीर तातूंत अर्दी वाटी नाल्ला – सोय, एक बारीक कापिल्ली हरवी मिरसांग, रुची पुरतें मीठ घालून सगळें मिश्रण कालोवन घेवचें. एक बारीक शिनिल्लो कांदो घातल्यान आनीक रुचीक बरी जाता.

तोंडाक लावपाचो एक उप पदार्थ म्हणून जेवणावेळार किस्मूर पानार वाडटात. सद्याक किस्मूर ह्या खाणा प्रकाराक कोंकणी प्रदेशांतलो खाशेलो खाणा प्रकार म्हणून मान्यताय मेळल्या. पंचतारांकीत हॉटेलांनी आतां हो ह्या प्रदेशाचो खाशेलो पदार्थ म्हणून वाडप जाता.

– **श्रीमती आमिता नायक सलत्री**

कीर्तन : कीर्तन हो शब्द 'कीर्त' (तुस्त, वर्णन, गूण) ह्या शब्दावयल्यान आयला. कीर्तन ह्या शब्दाचो अर्थ ईश्वर भजन जाता. नवविद्या भक्तींतलो 'कीर्तनभक्ती' हो दुसरो प्रकार. भगवंताच्या गुणांचे आनी लीलांचे कथन करप. भगवंताच्या नावाचें संकींतन करप. हें ताचें मुखेल स्वरुप.

भागवत पुराणान कलियुगांत फकत नाम संकीर्तनाकूच प्राधान्य दिलां.

कलेर्दोषनिधे राजन्नस्ति ह्येको महान् गुणः ।

कीर्तनादेव कृष्णस्य मुक्तसङ्गः परं ब्रजेत् ॥

अर्थ – हे राजा, कलियूग हें देशांचे भांडार आसा. पूण हाचो एक मोटो गूण असो की ह्या युगांत फकत कृष्णाचे कीर्त भक्तिनूच मनीस संगविरयत जावन परमपदाक वता.

कीर्तनाचे मुखेल आंग सांगपाचे म्हळयार भगवंताचें चरित्र कथन आनी गुणगान. तरी ताचेंवरवीं जगात सन्मार्गाचो उपदेश करप, होय कीर्तनाचो एक हेत आसता. तो सादपाखातीर कीर्तनांत देवाच्यो आनी भक्तांच्यो कथा सांगून वेगवेगळ्या मळांवयले उच्च आदर्श समाजाफुडें दवरपाची प्रथा कीर्तनावरवीं चलत आयल्या. कीर्तनाक लागून धर्मप्रसाराचेंय कार्य जाता. देखून, कीर्तन ही एक सामाजीक संस्था जाली. कीर्तन चड करून देवळांतूच करतात.

कीर्तनकाराक मराठींत 'हरिदास' वा 'कथेकरीबुंवा' अशें म्हणटात. हरिदास आपलो भेस धवेंफुल्ल धोतर न्हेसून वयर उपरणें येता आनी माथ्याक पगडी घालता. ताच्या हातांत चिपळ्यो आसतात. कीर्तनांत पेटी – तबल्याची साथ आसता देखून हरिदासाक ताल – सुरांचेर गावंक येवंक जाय. ताच्या फाटल्यान केन्नाय ताचो साथिदार साथ दिवपाक उबो आसता. हरिदासान सुरू केल्लें पद वा श्लोक तो स्वता पुराय करता आनी मर्दी – मर्दी हरिदासाच्या सयत सूर मेळोवन साथ करता, हरिदासाक संस्कृत भास, न्याय, वेदान्त, इतिहास, पुराणां, मराठी आनी हिंदी काव्य, आध्यात्मशास्त्र हाचें गिन्यान आसूंक जाय. प्रचलीत समाजीक, धर्मीक आनी राजकी विशय तशेंच उदेंत आनी अस्तंत तत्वगिन्यान हांचीय वळख ताका आसूंक जाय आयकुप्यांच्या चित्तांत हेर रसां वांगडा भक्तिरसाचो परिमोश करप हे कीर्तनाचें प्रयोजन

आशिल्ल्यान वेवस्थीत पोशाख, विद्वत्ता, वक्तृत्व, गायन, वादन (संगीत) नृत्य, विनोद आनी सभ्यतेचे मान दिल्लो शृंगार ही कीर्तनाचीं आंगां आसात.

किर्तनाच्यो कार्यावळी देवळांनी, तिर्थक्षेत्रांनी, वेगवेगळ्या देवांचे उत्सव, जयंती आनी हेर प्रसंगा वेळार जातात. वैयक्तीक तशेंच रासवळ, संगीत आसूं येता. रासवळ कीर्तनाक 'चक्री कीर्तन' अशें म्हणटात. हातूंत ३-४ वा चड हरिदास वांटो घेतात. तातूंत नाचांचोय आस्पाव आसता. कीर्तनांत मदीं मदीं भजन करून, देवाचो आनी संतांचो जयजयकार करतात. परंपरेक धरून कीर्तन संस्थेचे आद्य प्रवर्तक नारदमुनी अशें म्हणटात. श्रीमद्भगवतांसारख्या ग्रथांत कीर्तनाचे महिमा विस्तारात वर्णन केला. महाराष्ट्रांत ज्ञानेश्वर, नामदेव, एकनाथ, तुकाराम आनी रामदास ह्या संतानी आनी ताचे शिष्य - परंपरेन कीर्तन संस्थाचो विशेश प्रचार केलो. संत नामदेवाक महाराष्ट्राचो आद्य कीर्तनकार मानतात.

कीर्तनाची दोन आंगा आसतात. एक 'पूर्वरंग' आनी दुसरे 'उत्तररंग'. पूर्वरंगात एकाद्र्या पारमार्थीक विशयाचें निरुपण आसता आनी उत्तर रंगांत त्याच विशयाचे देखीक म्हूण रामायण, महाभारत आनी पुराणां हातुंतलें एकाद्रे आख्यान सांगता. कीर्तनकार पयलीं गणपती आनी हेर इश्ट देवतांचे नमन करूंक मंगलाचरण म्हणटा. मागीर एक ध्रुपद गावन भजन करता. उपरांत एक संतांचो अभंग गावन ताच्या आदाराचेर भक्ति - ज्ञान - वैराग्याचें निरुपण सांगता. ह्या दोन रंगाचें मदीं कीर्तनकाराक हार घालतात आनी सगळ्यांक बुको लायतात. आख्यान सोंपतकच परत मूळपदार येवन 'हेचि दान दे गा देवा' ह्या अभंगान कीर्तन सोंपता. वारकरी संप्रदायाच्या कीर्तनांत आख्यानाक दुय्यम स्थान आसता. ताचें मुखेल तत्व म्हळ्यार निरुपण आनी भजन. निरुपण सांगपी मदीं उबो रावता आनी ताचे दोनूय वटेन कितलेशेच साथिदार झांजो घेवन उबें रावतात. कीर्तनकारान अभंगाचो चरण म्हळो, की रोखडेच ते ताका ताच्या सुरांत साथ दितात.

भारताच्या सगळ्या वाठारांनी कीर्तनाच्यो विंगडविंगड प्रथा प्रचलीत आसात. खबरांपत्रां, मासिकां, व्याख्यानां ह्या साधनांचो उपेग सुशिक्षीत समाजा इतलोच मर्यादीत उरता. पूण अशिक्षीत वा सामान्य लोकांक आत्म कर्तव्याची जाण करून दिवपाखातीर कीर्तन हें लोक जागृतायेचें बरें साधन आसा.

गोंयांत व्हड व्हड देवळांनी नवरात्रांचो उत्सव रातचो चलता आनी ह्यो ९ वूय राती कीर्तनाचो कार्यक्रम एकूच हरिदास करता. कीर्तनाचें शिक्षण दिवपी विद्यालय गोंयांत कवळें हांगा 'शांकर संस्कृत पाठशाळा' ह्या नांवान प्रसिद्ध आसा. गोंयांत, गोंयची कला अकादमी संस्था दर वर्सा 'कीर्तन महोत्सव' घडोवन हाडटा आनी ह्या कीर्तन महोत्सवांत नामनेचे किर्तनकार वांटो घेतात. हालिंसरां कीर्तन महोत्सवांनी प्रायोगीक बदल म्हणून बाल किर्तन (ल्हान पिरायेच्या किर्तनकारांनी केल्लें), बायल - किर्तन (बायल किर्तनकारांनी केल्लें), चक्री कीर्तन (सामुदायीकपणान केल्लें) अशे किर्तनाचे प्रकार सादर जातात.

१४ व्या शेकड्यांतलो दक्षिणांतलो कीर्तन हो गायनांतलो एक प्रकार. देवाची प्रार्थना वा गुणगान गावप हेंच कीर्तनाचो मुखेल उद्देश. कीर्तनांत स्वरचनेपरस गीतरचना म्हत्वाची आसा.

१५-१६ व्या शेकड्यांतली सुमार २० हजार

कीर्तना ताळ्ळ पांक्कम् संगितकारान ताम्र पत्राचेर बरोवन दिवरील्ली. गायनांतलें कितलेशेच राग गांवानीच वळखतात. देखीक – आबाली, कोंडा, मलहाहरी, शंकराभरण, श्रीराग, ललित हेर.

पल्लवी, अनुपल्लवी आनी चरण हे तीन गीतांचे भाग ताच्या (ताळ्ळ पाक्कम्) कीर्तनांनी दिसतात. तशेंच आयज प्रसिद्ध आशिल्ल्या रागांतय ताळ्ळ पाक्कम् संगितकारान कीर्तन रचना केल्ली दिश्टी पडटा.

'दिव्यनाम कीर्तन' हो कीर्तनाचो मुखेल असो प्रकार जातूंत फकत पल्लवी आनी चरण हे दोनूच भाग मेळटात. चरणाची संख्या खूब आशिल्ल्यान सगळे चरण एकाच चालींत म्हणटात. केन्ना–केन्ना पल्लवी आनी चरण हांचीय चाल एकूच आसता.

त्यागराग, विजय गोपाळ आनी भद्राचलम् रामदास हांच्यानी अश्या प्रकाराची कीर्तना रचल्यात. 'उत्सव संप्रदाय कीर्तन,' 'मानस पुजा कीर्तन' आनी 'संक्षेप रामायण कीर्तन' हेंय कांय कीर्तनाचे प्रकार आसात. कितलिंशींच कीर्तना संस्कृत भाशेंत रचिल्ली आसली तरी तेलगू भाशेंतल्या कीर्तनाचे प्रकार चड दिश्टी पडटात.

अन्नमाचार्य, पेद्य तिरुमलयंगार, चिन्मय, पुरंदरदास, भद्राचलम् रामदास, नारायण तीर्थ, गिरिराज कवी, विजय गोपाल स्वामी, त्यागराज, गोपाळकृष्ण भारती, अरुणाचल कविराचर, रामलिंगस्वामी अशें श्रेष्ठ किर्तनकार जावन गेले.

बंगाल आनी मणिपूर हांगा कीर्तन ह्या नांवान एक पुर्विल्ले लोकनृत्य प्रचलीत आसा. मंजीर, करताळ, मृदंग ह्या वाद्यांची साथ घेवन नर्तक वाटकुळो नाचता आनी भावभक्ती पूर्ण गीतां गायता.

संस्कृत शिल्प साहित्यांत, अग्निपुराणांत, जात कमालेंत तशेंच कांय शिलालेखांत 'कीर्तन' हो शब्द प्रसाद वा देवूळ ह्या अर्थान आयला. ७ व्या शेकड्यांत भौशीक धर्मार्थ वास्तूक 'कीर्तन' अशें म्हण्टाले.

– सं. मं.

कीर : कीर हाचें शास्त्रीय नांव सिटॅक्युला. हाका पोपट ह्याय नांवान वळखतात. इंग्लिशींत ताका पेरट अशें म्हणटा. चडशा कीरांची लांबाय सुमार २५ सेंमी आसता. तर ऑस्ट्रेलियेंत मेळपी पोपटांची लांबाय १० सें. मी. ते १०० सें.मी. मेरेन आसता. हे सुकणें वेगवेगळ्या रंगाचे आसता. चडशे कीर पाचव्या रंगाचे आसतात. तांचे कुडिचे भागार तांबडे, हळडुवे, निळे, काळे अशे वेगवेगळे रंग आसतात. ताची तांबडी वा हळडुवी चोंच मोटवी, घट्ट आनी वांकडी आसता. आपलें अन्न घट्ट धरपाक वा फोडून खावपाक, तशेंच रुखांच्या खांद्यांचेर चडपाक वा भोंवपाक ताचे चोंचिचो उपेग जाता. पांय मोटवे आसून तांका चार बोटां आसतात. पांयांचेर बारीक – बारीक खवळां आसतात. बोटांचे खाशेले रचणुकेंक लागून तो झाडाच्या खांद्यांचेर सहज भोंवपाक शकता. तो आपलें अन्नूय बोटांनी घट्ट धरपाक शकता.

कीर हे चोंम्यांनी रावपी सवणें. सिटासि फर्मिस गणाक, सिटासिडी कुटंबाक आनी सिटाक्यूल जातिचे हें सवणें. कीराच्यो साबार जाती आसून मॅका, लोरी, काकाकुवा, बजरीगार, पॅराकीट, कॉन्यक हांचो तातूंत आस्पाव जाता. राघू, कीर आनी तोता ह्या जातिंचे पोपट मुखेलपणान सगळेकडेन मेळटात. राघू ह्या पोपटाचें शास्त्रीय नांव सिटॅक्युला सुपॅट्रिया. हे जातिचे पोपट चोंब्यांनी दाट रानांत रावतात. तांचो रंग उजळ

पाचवो आसून, चोंच तांबडी, माने भोंवतणी गुलाबी पट्टो आनी शेंपडी तांब आसता. तोता ह्या पोपटाचें शास्त्रीय नांव सिटॅग्युला सायनोसोला. हो मुखेलपणान रानांत रावता. तो कीर वा राघू हांचेपरस नेटान उडपाक शकता. पूण ताचो आवाज म्होंवाळ आसता. कीर ह्या शेवण्याची सोबितकाय आगळी अशी आकर्शक आसतात.

पोपट सादारणपणान फेब्रुवारी ते एप्रील म्हयन्यांनी व्हियेता. कांय जातिंनी हो काळ फाटीं फुडें आसता. ते आपले घोंटेर झाडाच्या बुराकांनी, ऊंच घराच्या घोलिंनी आनी केन्ना केन्नाय खडपांच्या खांचिंनी बांदतात. तांचो घोंटेर सादो आसता. मादी दर खेपेक २-५ तांतयां घालता. सादारणपणान तीन सप्तकां उपरांत तांतयां फुटून पिलां भायर येतात. नर आनी मादी आपल्या अन्नपुटांतलें अर्दवट पचिल्लें अन्न भायर काडून पिलांक दितात. रानफळां हें तांचें मुखेल खाण. तो सगळ्या तरांची ल्हान व्हड फळां आनी धान्य खाता. ताका पेरासारख्या घट्ट फळांची चड आवड. पूण सबंद फळ ते केन्नाच खायनात. फळाचो ल्हान कुडको खावन उरिल्लें फळ तशेंच सांडटात. अशे तरेन पोरसांतल्या फळांची, कणसांची ते खूब नाशाडी करतात.



राघू आनी कीर ह्या पोपटांचो आवाज जरी कर्कश आनी किळांचे भशेन आसलो, तरी पांदऱ्यांत पोसून शिकयले उपरांत ते मनशाप्रमाण कांय शब्दोच्चार करूंक शकतात. तशेंच, ल्हान ल्हान वाक्यांय उलोवपाक शकतात. हाका लागून साबार लोक तांकां पोसतात. हे वेळार एखादें ल्हान भुरगें आसत तर ताचोय संवाद पोपटाकडेन जाता आनी ते ताच्या सांगातान गुल्ल जाता. कांय शिकयल्ले पोपट सर्कशींत साबार खेळ करून दाखयतात. गांवगिऱ्या वाठारांत पोपटा वरवीं भविश्य सांगपी भविश्यकार पोपटाचो पांजरो घेवन भोंवतात. भविश्य बरयल्ले तक्ते (कार्डां) पांजऱ्यांत आदींच दवरलेलीं आसता. जाचें भविश्य सांगपाक जाय ताचें नांव घेवंन भविश्य सांगपी जोतिशी पोपटाक पांजऱ्यांतलें एक कार्ड हाडपाक सांगता. ताका शिकयल्ल्याप्रमाण, कीर एक कार्ड चोंचींत धरून भायर हाडटा आनी जोतिशामुखार दवरता. जोतिशी त्या कार्डावयलो मजकूर भविश्य आयकुप्याक आयिल्ल्याक वाचून दाखयता. तेखातीर तो ताचेकडल्यान आपली फी घेता. वेगवेगळ्या कार्डांचेर आदींच भविश्य बरोवन दवरप आनी किरान तातुंतलें एक कार्ड हाडप ह्या योगा योगाचेर आधारिल्लें हें भविश्य - कथन. हाचेर कितको विस्वास दवरचो हें जाचे - ताचें मानसीक कुवतिचेर थारता.

असोच भविश्य सांगपी ऑक्टोंपस नांवाच्या प्राण्याचो विदेशांत आतां वापर जावंक लागला. हालींच जाल्ले जागतीक फुटबॉल मॅचिंनी (२०१०)

भविश्य सांगपी कीर

ह्या ऑक्टोपसान निवड केल्ल्या चडशा संघांक जैत मेळिल्ल्याचें दिसलां. हांगा कार्डांचो वापर जावंक ना. ते जाग्यार त्या त्या संघाच्या देशाच्या झेंड्याचो आनी ताचेवयल्या रंगाचो आधार घेतला. ऑक्टपसाचें खाण दवरलेल्या पेटयांचेर त्या त्या देशाच्या झेंड्याचें चित्र दवरून ऑक्टोपसाक त्या पेट्यांचेर सोडलो. ऑक्टोपस जे पेटयेर स्थीर रावलो ते पेटयेर ज्या देशाच्या झेंड्याचें चीत्र आसलें त्या देशाची जैताखातीर ताणें निवड केली अशें भविश्य धरप जालें. अशेच ऑक्टोपसावरवीं केल्लें भविश्य बऱ्याच प्रमाणांत खरें जालें आसलें, तरी कांय विज्ञानीक नदरेच्या मनशांक ऑक्टोपसाचें पेटयेर स्थीर रावप हें भविश्य दिसना. तर ते पेटयेर काडिल्ल्या झेंड्याच्या रंगाचें ऑक्टपसाक आशिल्लें आकर्शण दिसता.

अशेच तरेन ऑस्ट्रेलिया देशांत मानगें ह्या प्राण्याचो भविश्य सांगपाक उपेग करप जाला. ऑस्ट्रेलियांत जावपी सार्वत्रीक वेंचणुकेंत (२०११) खंयचो उमेदवार प्रधानमंत्री पदाखातीर वेंचून येतलो हाचें भविश्य सांगपाक वेंचणुकेंत उबे आशिल्ल्या दोन उमेदवारांच्या फोटवामुखार प्रत्येकी एक कोंबो दवरप जालें. जाच्या फोटवामुखावयलो कोंबो मानगें खातलें तो उमेदवार विजयी जातलो असो संकेत दवरलो.

कीर हो आपल्या तोंडांतल्यान कुर्र – कुर्र असो सतत आवाज काडीत आसता. ह्या आवाजाक एक धार उरिल्ल्यान ताचो आयकतल्याचेर एक तरेचो प्रभाव पडटा. म्हणून कोणय जर चटपटीत उलयलो तर ताका 'किरा सारखो किरकिरता' (उलयता) अशें म्हणटात. धालांच्या मांडावयल्या गितांनी ह्या किराचो

उल्लेख येता. अशें व एकगीत सकयल दिलांः

माडावयलो कीर बाये शेंपडी हायलता
सवाशिणी बायले दोळे मोडिता
फूगे फू सये, फूगडी फू

– सं. मं.

कुंकळ्येकर वैकुंठ द : पळयात : के. वैकुंठ दत्ताराम कुंकळ्येकर

कुंडली : बारा राशी आनी णव गिरे मांडून तयार केल्लेया चौकटेंतल्या कोइटकाक कुंडली अशें म्हणटात. हे चौंकटेंत भुरग्याच्या जल्मावेळार आशिल्ली गिऱ्यांची स्थिती मांडिल्ली आसता.

मूळ संस्कृत भाशेंत वा ज्योतिषशास्त्रांत हे चौकटीक द्वादशभाव चक्र अशेंय म्हणटात. प्राकृत भाशेंत तिका कुंडली म्हळां. कोंकणींत तिका जातक, नक्षत्र आनी जल्म पत्रिका अशेंय म्हणटात.

भुरगें जल्मता तेन्ना खंयचे गिरे खंयच्या स्थानांत आसात, हाचो आराखडो गणिताच्या आदारान मेळटा. हो आराखडो एके खाशेले भाशेंत वा चौकटींत मांडता.

कुंडलींत बारा घरां आसतात. ह्या बारा घरांत बारा राशी आसतात तातूंत पयली रास लग्नरास आसता. लग्नरास म्हळ्यार जल्माच्या वेळार पूर्व क्षितिजाचेर उद्देल्ली रास. ही रास बारा राशींपैकी खंयचीय आसूं येता. देखीक – मार्च म्हयन्यांत रातिच्या बारा वरांचेर वृश्चिक रास उदेल्ली आसत. जाल्यार वृश्चिक ही आठवी रास आशिल्ल्यान कुंडलीच्या पयल्या घरांत आठ हो आंकडो म्हळ्यारूच हें कुंडलीची लग्नरास वृश्चिक. वृश्चिक पयल्या स्थानार बरोवन सुरवात केल्ली अशा मनशाची कुंडली ही अशी आसता.

हे कुंडलेंत ८ हें पयलें घर, ९ दुसरें, १० तिसरें, ११ चवथें अशेतरेन मेजपाक सुरवात जाता. रास खंयचीय आसूं, एका एका स्थानाक वेगवेगळी नांवां आसतात. तांची मुखेल नांवां अशीं

कुंडली तयार करतना थळाचो जल्मवेळ अचूक आसचो पडटा. कारण एके राशी लग्नाचो वेळ सोंपून दुसरे राशीचो वेळ सुरू जावपाच्या संधीकाळाक वेळ, वरां सारकीं आसचीं पडटात. एक – दोन मिनिटांचो फरक पडल्यार पुराय गणित चुकता.

तशेंच जल्मथळाचो अक्षांश, रेखांश हांचोय विचार करून कुंडली मांडची पडटा. टिपणांत दोन कुंडल्यो आसतात. राशी कुंडली वा ग्रहरांचार चक्र आनी दुसरी जल्मकुंडली वा जल्मलग्नचक्र. एखाद्या जल्माच्या वेळार चंद्र जे राशींत आसता, ती त्या मनशाची रास म्हणटात. ते राशीचो अंक तनुस्थानांत बरयलो आनी ते प्रमाण फुडें राशीचे आकडे



श्री समर्थ रामदासाची कुंडली

बरयले, जाल्यार ती राशीकुंडली जाता. जल्मलग्न कुंडली म्हळ्यार जल्मावेळार त्या मनशाक मेळिल्ली उदेंत क्षितिजार उदेल्ली रास. म्हळ्यारूच लग्न हें मुखेल धरून ती लग्नरास पयल्या घरांत मांडून केल्ली कुंडली. हाचेभायर संपात (भ्रमण) चलन मतींत घेवन तयार केल्ले कुंडलेक 'सायन कुंडली' अशें म्हणटात. तशेच संपात लक्षांत घेनासतना केल्ले कुंडलेक 'निरयन कुंडली' अशें म्हणटात. पंचांग खंयचे पद्धतीचेर आधारिल्ले आसा. ताचेवेल्यान कुंडलींत कांय प्रमाणात फरक पडटा. निरयन वा सायन पंचांग कुंडली करपाक वापरलें ज़ाल्यार तसो स्पश्ट उल्लेख करचो पडटा. मांडणेचे पद्धतीवेल्यान 'होरा कुंडली', 'नवमांश कुंडली' अशेंय कांय प्रकार आसात.

उपेग करता मनशाचो भूत, वर्तमान आनी भविष्य सांगपाक ज्योतिशी कुंडलिचो ज्योतिशी मनशाची कुंडली मांडून गिऱ्यांचे स्थितीचो अभ्यास करून ते प्रमाण आपलें मत सांगता. सादारणपणान कुंडली म्हळ्यार मळबाचो (आयुश्याचो) नकासो अशें मानतात. पूण ही कल्पना वराहमिहिराक मान्य ना. ताचे आनी कांय अस्तंत्या ज्योतिश-शास्त्रज्ञांचे अशें मत आसा की भविश्य सांगतना, कुंडलीचोच विचार करिनासताना, त्या मनशाचो देश, जल्मथळ, जात, सामाजीक प्रथा आनी पुनर्जल्म ह्या सिद्धांतांकडेन कुंडलीचो संबंद जोडला. हिंदू समाजामदीं हेर प्रसंगावांगडाच, लग्नसंबंध जोडचे वेळार चलो आनी चली हांची कुंडली पळोवपाची पद्दत आसा. कुंडलींतल्या छत्तीस गुणामदले दोगांयच्या कुंडलिंतले चडांत चड गूण जुळचे अशी अपेक्षा आसता. हाका नक्षत्र पळोवप अशें महणटा आनी कुंडलीक जल्मपत्रिका म्हणटा. जल्मपत्रिका वेवस्थीत जुळलिना तर लग्नसंबंध घडोवप ना. असो संबंध फुडाराक लग्न जातल्या जोडप्याचो संसाराक बाधा हाडटा अशी समजूत आसा. हेर सगळ्यो गजाली (धर्म, जात, शिक्षण, चाकरी, वेवसाय, घर-दार, भाट-भेंस, रूप-रंग) जुळून आयल्यो आनी जल्मपत्रिकेप्रमाण नक्षत्र जुळलेंना तर लग्न-संबंध मुखार न व्हरपी लोक आजय कांय प्रमाणांत समाजांत मेळटात. आधुनीक काळांत, शिक्षण, वेवसाय, प्रेम संबंध आनी विज्ञानीक विचारसरणिचो प्रभाव हांका लागून लग्न संबंधांत कुंडलिक व्हडलेशें म्हत्व दिनात. जांच्यो कुंडली उपलब्ध नात वा त्यो सारक्यो जुळनात तर देवाक प्रसाद (कौल) लावपाचो पर्याय घेवन लग्न संबंध जोडपाची पद्धत कांयकडेन चालू आसा. कुंडलिचेच धर्तेर, युरोपियन समाजांत होरोस्कोप (Horoscope) वेव्हारांत घोळटा. पूण ताचो वापर भविश्य समजून घेवपा पुरतो जाता.

कुंडली तयार करप आनी ती पळोवप हें खूप आर्दी सांवन चलत आसा. वाल्मिकी रामायणांत प्रभू रामचंद्राची कुंडली दिल्ली आसा. सगळ्यांत पुर्विल्ली कुंडली मेसो पोटेमियांत सापडल्या अशें जाणकारांचे मत आसा

– सं. मं.

कुंडो : धान्याच्या आवरणाक 'कुंडो' अशें म्हणटात. हातूंत सादारणपणान ३५% भितरल्या गराची कात आनी कोंब, जाल्यार ६५% वयली आधन्याची कात हांचो आस्पाव जाता. हातूंत कणीय आसता. ह्या सगळ्या घटकांक एकमेकासांवन पयस काडप सोपें नासता. भाताचें वयलें कल्ल काडटकच तांदूळ मेळटा. ह्या काडिल्ल्या कल्लाक कुंडो म्हणटात. गंवासारकिल्ल्या धान्यांतय कुंडो मेळटा.

कुंड्यांचे खूप प्रकार आसा. पूण कोंकणात मेळपी कुंड्यांत वयल्या धान्याची कात, भितरल्या गराची कात आनी कोंब हांचो आस्पाव जाता. नव्या प्रकारच्या तांदळांचे गिरणींत, उकड्या भातांतल्यान आनी सुरय तांदळांच्या कुंड्यांतल्यान ह्यो, तिनय गजाली वेगळ्यो काडूंक येतात.

ह्या कुंड्यांत ५% चरबी, ६% प्रथिन, १६% गोबोरं आनी ३०% तंतू हांच्यावांगडा व्हिटामिन बी कॉम्प्लॅक्स जिवनसत्व आसता. उद्येगीक आनी शेतवडिच्या कामाक उपेगी पडपी कुंड्याच्या गोबरांत सिलीका , (८७–९७%), पोटॅश (०.५–२.५%), सोडियम (०–२%), कॅल्शियम (०.२–१.५%), मॅग्नेशियम (०.१–२%) आनी फॉस्फरस (०.२–३%) आसता.

कुंड्यांत भरपूर गुणधर्म आसात. कुंड्याची वट्ट घनताय ०.१ (१०० कि. / क्युबिक मी.) इतली आसता. आनी ताका परतून दळल्या उपरांत चारपटीन ती उणी करुंक येता. ताका ५.५ ते ६.५ (Mohs) निबरसाण आसता. ताची उश्मीय संवाहकता उणी आसता. तो ऊंच तापमानांत जळटा. १ कि. ग्रॅ. कुंडो २.५ कि. ग्रॅ. वाफ वा ३,२०० कि. ग्रॅ. कॅलरी इतली शक्त दिवंक शकता. ८२.८ कि. ग्रॅ. कुंडो जी वाफ तयार करता तिचेर १ हॉर्सपावरचें इंजीन एक वर चलपाक शकता.

धान्य कांडून कुंडो काडपाची पद्धत सर्रासपणान प्रचलीत आसा. (भारतांत १९५० मेरेन ६५% कुंडो कांडून काडटाले, १९७२ त हें प्रमाण १०% चेर पावलें). भात वायणांत घालून मुसळान तें कांडले उपरांत कुंडो मेळटा. कांयकडेन पांयांनीं कांडपाची पद्धत आसा. कोंकणांत 'वायन' हो प्रकार पयलीं घराघरांनी दिसतालो. हालिंसारां गिरणिंच्या प्रसाराक आनी वाडीक लागून हातान कांडून कुंडो तयार करपाची पद्धत फाटीं पडल्या. कुंड्यांतले सगळे पदार्थ आपशीच वेगवेगळे करपाचीच वेवस्था आताच्या गिरणिंनी आसा.

भारत आनी चीन सारक्या देशांनी ज्या ज्या जाग्यारं भात पिकता, थंय कुंडो तयार जाता. ह्या दोनूय देशाचें उत्पादन वट्ट संवसारीक उत्पादनाच्या अर्धापरस चड आसा. भाताचें संवसारीक उत्पादन सुमार ३८० दशलक्ष मॅट्रिक टन इतलें आसा. आनी कुंड्याचें उत्पादन समार ७६ मॅट्रीक टन इतलें जाता. कुंडो उत्पादक मुखेल देश म्हळ्यार चीन – २४४ लाख मॅट्रीक टन, भारत – १७० लाख मॅट्रीक टन, जपान – ३३ लाख, थायलंड – ३० लाख, विएतनाम – २४ लाख, ब्रह्मदेश – २२ लाख, ब्राझील – १७ लाख, फिलीपीन्स – १६ लाख आनी अमेरिकेची संयुक्त संस्थानां १२ लाख मॅट्रीक टन.

कुंड्याचो खूप तरेन उपेग करतात. गोरवां, घोडे, कुकडां, दुकर हांचे खाण म्हूण कुंडो उपेगांत येता. तेभायर ह्या जनावरांक रावपाखातीर गोठे बांदतात, थंय जमनीर कुंडो घालतात. गिरणिंखातीर वाफ तयार करूंक कुंडयाचो जळव म्हूण उपेग जाता. साऱ्यांतय कुंडयाचो उपेग करतात. विमानांची वेवस्था राखपाखातीर आनी प्लास्टीक आनी धातू घासपाखातीर कुंडयाचो उपेग जाता. तेल – प्रदुशण आळाबंदाक हाडपाखातीर आनी शाब्बाखातीर कुंडयाचो उपेग जाता. तो तो उश्णता निरोधक म्हणून वापरतात. कुंडयाचो गोबोर, रबर आनी शिमीट हांच्या उद्येगांत उपेगी पडटा. तशेंच विटो, टूथपेस्ट, वेल्डिंग, कुत्र्यांक आनी हेर जनावरांक लावपाची पावडर हातूंतय कुंड्याच्या गोबराचो उपेग जाता.

तांदळाच्या गरावयली कात पाव, केक ह्या सारक्या पदार्थांनी वापरतात. वखदांखातीर तिचो उपेग जाता. रिफायन्ड तेल उद्येगांतय तो उपेगी पडटा.

पुरक नोंद : भात

– सं. मं.

कुंदापूर : कर्नाटक राज्यांतल्या उत्तर कन्नड जिल्ल्यांतलो एक तालुको. ह्याच नांवाच्या शारांत ह्या तालुक्याचे मुखेल ठाणें आसा. हालडि, चक्रा, कोल्लूर, जम्बू आनी सुक्तीमती अशा पांच न्हयांचो, पंचागंगावळी संगम जावन जाल्या प्रदेशाचे दक्षिणेक कुंदापूर आसा. कुंदवर्मा नांवाच्या मनशान बांदिल्ल्या कुंदेश्वर देवालाच्या नांवावयल्यान कुन्दापूर नांव आयलें अशें म्हणटात. कुंदापूर प्रदेशांत कुंदापूर, वडंसे आनी बैंदूर हीं तीन गावां आस्पावतात.

कुंदापूर सांवन सात किलोमिटराचेर प्रसिद्ध कोटिलिंगेश्वर देवस्थान आसा. ह्या देवालयासंबंधीत कोटीतीर्थ ही पांच एकर सुवातिंचेर पातकिल्ली तळी आसा. कुंदापूर सांवन एक किलोमीटर उत्तरेक मरवंते गांवांत सौपर्णिका न्हंय आनी अरबी समुद्र हांच्या संगमाचेर, एक सैमीक सोबीतकायेचें, थळ आसा.

कुंदापुरचे दक्षिणेक ५ कि. मी. अंतराचेर कुंभास गांवांक लागून आने गुड्डे वाठारांत गणपती देवालय आसा. तुळुननाडूंतल्या सप्त क्षेत्रांमदलें हें एकक्षेत्र आसा. कुंदापूर सांवन ४० कि. मी. अंतराचेर कोडचाद्री पर्वताचेर मूळ मुकांबिका देवालय आसा. हें एक प्राचीन तशें पावन क्षेत्र आता कोल महर्षीचे प्रार्थनेखातीर मुका बिका हांगा येवन रावपी अशें म्हणटात. आदी शंकराचार्य हाणें सरस्वती विग्रह हांगा हाडून श्रीचक्र रचन करून, मुकांबिकाच्या नांवान लिंगाची प्रतिष्ठापना केली म्हणपाची माहिती आसा. कर्नाटक आनी केर प्रदेशांत व्हड संखेन मुकां बिका देवीक भजपी आनी हांगा येवंन तिचें दर्शन घेवपी तिचे भावीक आसात.

कुंदापूर सावन ७ कि. मी. अंतराचेर बसरूर ह्या वाराही न्हंय देगेर आशिल्ल्या गांवांत महालिंगेश्वर देवाचें मुखेल देवस्थान आसा. ह्या गावांत पडुके रितूदेवी, वेंकटरमण, रामचंद्र, दामोदर, महालसा नारायणी, सातेरी – कामाक्षी, हीं देवस्थानां आनी गोकर्ण मठ तशें काशी मठ हांच्यो शाखा आसात. तेचप्रमाण मुसलमानांच्यो मशिदी आनी ख्रिश्चनांच्यो इगर्जी आसात. कुंदापुरासांवन ३२ किलोमिटरांचेर आशिल्ल्या बैंदूर गांवांत, चालुक्य शैलिचें सेनेश्वर देवस्थान आसा. तेभायर हट्टीयंगडिचें गणपती देवस्थान, कंदाबर, गुड्डेम्मडीचें सुब्रम्हण्य देवस्थानी आनी शंकर नारायणाचे शंकर नारायण देवूळ ही देवालयां प्रसिद्ध आसात.

कुंदापूर प्रदेश हो सैमान नटिल्लो प्रदेश आसा. हांगा विविध प्रकारची वनस्पत आसून सुमार ६०५ हेक्टर जमिनिचो वनप्रदेश आसा. भात, कडधान्य, नाल्ल, काजू, आंबे, मिरीं, अनसां, चिकू, मिरसांगो अशीं व्हड प्रमाणांत हांगचे लोक पिकां काडटात आनी तांचो वेपार चलयतात. तशेंच कुंदापुराक दर्याची देग मेळिल्ल्यान आनी हांगच्या न्हंयांक लागून नुस्तेमारी व्हड प्रमाणांत चलता आनी मत्सोद्योग हो हांगचो शेती इतकोच म्हत्त्वाचो उद्योग आसा. कर्नाटकांत खाशेले पद्धतीन उबारिल्लें वराही भूगर्भ जलविद्युदागार कुंदापूर तालुक्यांतल्या हो संगडींत वाठारांत आसा. कन्नड भाशेक मेळिल्ली कुंदापूर –

शैली ही हांगच्या लोकांचे भाशेचे एक खाशेलेंपण आसा. कन्नड भाशेची कुंदापुरी – शैली ही हे काव्यात्मक अशी गोड शैली आसा. हेर कोंकणी वाठाराप्रमाण हांगच्या कोंकणी लोकांकडेन गिरेस्त कोंकणी लोक–कलेचें दायज आसा. अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचें १९ वे अखील भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलन ७–८ फेब्रुवारी २००९ दिसांनी हांगा आयोजीत जालां.

– सिद्धापूर वासुदेव भट्ट

कुंदापूर, उमाबाय : (जल्म १८९२ कुंदापुर)

कर्नाटकांतली स्वातंत्र्य सैनीक आनी समाजसेविका. वयाच्या धा व्या वर्सा ती मुंबय गेली. वयाच्या बाराव्या वर्सा तिचें लग्न जालें आनी तेवीस वर्सांची आसतांना तिचो घोव भायर पडून ती विधवा जाली.

मुंबय आसतांना तिचेर थंयचे स्वातंत्र्य चळवळिचो प्रभाव पडलो. लोकमान्य टिळकाचे शव यात्रेचो तिचेर खुपूच परिणाम जावन, तिणे आपले जिवीत स्वातंत्र्य चळवळीखातीर आनी समाज सेवेखातीर ओंपपाचें थारायलें. तिणें १९२०त अअसहकार चळवळींत वांटो घेतिल्लो आनी तेखातीर तिका तेन्ना अटकय जाल्ली. मुंबय तिणे कामगार वर्ग आनी बायलांखातीर साक्षरता वर्ग सुरू करून तांचेमर्दी समाज जागृताय निर्माण करपाचो वावर सुरू केलो.

घोव भायर पडले उप्रांत, हुबळी आशिल्लो तांचो गिरणिचो वेवसाय उबंतर पडपाक पावलो. तेन्ना तो वेवसाय चलोवपाक तशें आपल्या भावाक, ताच्या जाण्टेपणांत आदार दिवपाक ती हुबळी आयली. हांगाय तिणे समाज कार्य चालू दवरलें. तिणे हुबळीक टिळक कन्या शाळा सुरू केली. खादिचो प्रसार केलो. हर्डीकराच्या भारत सेवा दलाची ती मुखेल जाळवणदार आसली. महात्मा गांधी, राजेंद्र प्रसाद, वल्लभ भाय पटेल, जवाहर लाल नेहरू, सुभाषचंद्र बोस हांची प्रेरणा घेवन तिणे, मिठा सत्याग्रहांत वांटो घेवन तेखातीर बंदखणय भोगली. १९३४ त तिणे बिहारांत वचून थंय भूयकांप पिडितांखातीर काम केलें. तिणे हुबळीक बायलां हॉस्पीटल सुरू करपाक फुडाकार घेतलो. तिणे १९४२ च्या भूंयगत सत्याग्रहींक आपणाकडेन आसरो दिल्लो. तिणे खूपशीं महिला मंडळां स्थापन करून बायलांक कार्यरत केलीं. तिच्या वावराचें मोल पळोवन लोकांनी 'कर्नाटकाची कस्तुरबा' म्हणून तिचें कवतुक केलें. कर्नाटक सरकारान १९७२ वर्सा तिच्या कार्याची दखल घेवन तिचो भोवमान केलो.

– सं. मं.

कुंवळ : शीत कालवण्याचो एक प्रकार. जित्यो मिरसांगो आनी कातिल्ली सोय फातरीर वा मिक्सरांत बारीक वांटून पेस्ट कशी तयार करप आनी हे पेस्टीक फावो तितके उदक घालून, चुलीर दवरून शिजोवप. रूची पुरतें मीठ आनी सांसवांचे फोण्ण दिवन आयदन चुली वयलें सकयल दवरप.

चड पदार्थ वापरनासतना आनी थोड्या वेळा भितर जावपी हें कालवणें आशिल्ल्यान, ताकतिकेचे गरजेवेळार हें तयार करतात. एक बदल म्हणूनय कुंवळ करतात.

पुरक नोंद : कडी

– सं. मं.

कुकड (कोंबो, कोंबी आनी कोंबये पील): एक पाळीव प्राणी (सुकणें) हेर सुकण्यांसारकींच तांकां चोंच, पाखां आनी पांयांक खूर आसतात. फकत हांकां तकलेर शेकरें आसतात. वंश – गॅलस, घराणें – फासिआनिए (Phasianiae). पाळीव वा घरकोंबी हांकां 'गॅलस डॉमेस्टीकस' अशें म्हणटात. कुकडां मजगतीं घरकोंबी, बदकां गीज, हरकी आनी गिनी कुकड हांचो आस्पाव जाता. हातूंत घरकोंबयेक चड म्हत्व भारतांत आसा. क्रिस्ताआदीं २०० वर्सां पयलीं सांवन मनीस कुकडां पोसतालो असो उल्लेख मेळटा. पोशिल्ले कोंबडेच्या पूर्वजाचो उगम आग्नेय आशियेंत जालो अशें समजतात. कुकडांच्यो शंबरांपरस चड जाती अस्तित्वांत आसात. मूळ थळ वा वाठार, रूप, रंग, आकार, वजन हांच्या आदाराचेर सादारणपणान तांचे वर्गीकरण केल्ले दिश्टी पडटा. १) भूंयमध्य दर्या वाठारांतल्यो जाती, २) आशियांतल्यो जाती, ३) अमेरिकन जाती, ४) इंग्लीश जाती, ५) भारतांतल्यो जाती अशो पांच जाती त्यो आसात



१) भूंयमध्य दर्या वाठारांतल्यो जाती – हे जातिंतलीं कुंकडां वजनान ल्हव आनी शिटूक, नाजूक पूण सभावान भिजूड आसतात आनी तांतयां बेगीन घालतात. हेर जातीं परस कमी खावड खावन चड तांतयां दिवप हें ताचें खाशेलेपण आसा.

२) आशियांतल्यो जाती – हीं कुंकडा चड वजनाचीं आनी मांसाखातीर उपेगी पडपी आसातात. हांच्या तांतयांचो कोर तांबसो विरकरो आसता. हीं कुकडां उसरां तांतयां घालतात आनी तांकां भरपूर खावड लागता. तांच्या पांयांक भरपूर 'पांखां आसतात.

३) अमेरिकन जाती – हे जातिचीं कुकडां तांतया तशेंच मांसाखातीर उपेगी पडटात. हातुंतलो प्लिमथ रॉक, वायनडॉट्स, ऱ्होड आयलंड रेड आनी न्यू हॅम्पशर ह्यो जाती म्हत्वाच्यो आसात.

४) इंग्लीश जाती – मांसाखातीर हे जातिच्या कुकडांची नामना आसा. तीं तांबश्या कोराचीं तांतयां घालतात.

५) भारतांतल्यो जाती – भारतांतल्या सगळ्या

जातींक देशी ह्या नांवान वळखतात, तरी असील, पंजाब, काश्मीर, चित्तगांग ह्या नांवांनूय कांय कुकडांक वळखतात. घटमूट पांय आशिल्ली ही जात बळिश्ट आसता. तांचेपसून संकर करून मांसाळ कुकडां पैदास करतात.

कुकडांच्या शरिराचीय एक खाशेली अशी रचणूक आसता. हाडांचे रचणुकेचेर आदारीत आशिल्लो शरिराचो आकार म्हत्वाच्या अवयवांची राखण करता. तांची हाडां मासाळ. तांकां हवेच्यो पिशव्यो आसतात, जाचेवरवीं तांकां उस्वास घेवपाक आनी उडपाक सोंपें पडटा. तांचे चोंचिचे वयर नाकपुड्यो आसता. तांची तकली आंगांच्या मानान ल्हान आसता. तांची मान लांब आनी लवचीक आसता. तांचे मानेचे मणके एकमेकांचेर अशेतरेन बसयल्ले आसतात, जांचेवरवीं तांकां ती मान जाय थंय घुंवडावंक मेळटा. तांच्या कमराचो सांगाडो जननाचें आनी तांतयां घालपाचें काम सोंपें करता. कुकडांक पांखां आसलीं तरी तीं हेर सुकण्यांसारकीं हवेंत उडना, तर जमनिवयल्यान चलता. कोंबो, कोंबी आनी तांची पिलां, असो तांचो कुटूंब म्हळ्यार जाता. तीं घुडांनी आसरो घेतात.

कोंबो – पांच ते स म्हयन्याच्या, दादल्या कुकडाक कोंबो म्हणटात, ताचें पयलीं ताका 'तलगो' (कोकरेल) म्हणटात.

कोंबी – पांच ते स म्हयन्याचे बायल कुकडाक कोंबी म्हणटात. ताचेपयलीं ताका 'तलग' (फुलेट) म्हणटात.

पिलां – कोंबयेच्या धाकट्या पोरांक पिलां म्हणटात. तांकां उबोवन तांतयांच्यान भायर येवपाक एकवीस दीस लागतात. रवाणेचे कोंबयेखाला दवरून वा तांतयां उबोवपाच्या मशिनांत फलीकरण जाल्लीं तांतयां उबोवन पिलां काडटात. भायले कोंबयेपरस देशी कोंबयेंत तांतयां उबोवपाची शक्त चड आसता.

कुकडांक पुश्टिची आनी बरी खावड दिवची पडटा. तशेंच तांकां ॲमिनो ॲसिड्स आनी 'ब' जिवन सत्वांचो आस्पाव आशिल्ली खावड दितात. तांच्या आहारांत चडकरून गंव, मको, भाताचो कुंडो, गंवाचो कुंडो, पेंड आदी खावडिचो आस्पाव जाता. ही खावड भडड्याच्या रूपांत वा ल्हान ल्हान गुळयो करून दितात. मानमोडी, देवी, रक्ताची हागवण अशा सारकिल्ल्या रोगांची बादा कुकडांक जाता.

पिलांक रोगाची आनी बदलत्या हवामानाची रोखडीच बादा जाता म्हूण तांची जतनाय घेवची पडटा. देखून पिलां जातकच तांकां ४ सप्तकांमेरेन ऊब दिवपाची वेवस्था आशिल्ले दायीत (Brooder) दवरतात. विजेचे बल्ब लावनय अशी वेवस्था करूं येता. उपरांत तांकां ८ ते १० सप्तकांमेरेन वाडपाच्या घरांत दवरतात. मानमोडी– होय रोग पिलां मदीं पसरता. हो रोग जातकच पिलां मान वयर काडून उरफाटीं चलतात, चोंची उगडून उस्वास घेतात, मान घुंवडायत रावतात. हो रोग लागल्या उपरांत ३–४ दिसांनी कुकडां मरतात. अशावेळार तांका वाशिनां दिवन ह्या रोगाचेर आळाबंदा हाडटात.

देवी – 'बोरिलिएटा एव्हियम' नांवाच्या जंतुपसून हो संसर्गजन्य रोग जाता. हाकालागून कातिचेर फोड येतात. नाक आनी दोळ्यांतल्यान ओंकीर व्हांवता देखून पिलां ६ सप्तकाची जातकच तांकां ह्या रोगाआड वाशिनां तोंपून घेवंक जाय. कुकडांक 'टायफॉयड्' आनी 'प्लोरम' हे रोग जातकच ती

निस्तेज जातात. हाका आळाबंदा हाडपाक ऑरिओ मायसीन हें प्रतिजैव वखद दितात.

रक्ताची हागवण – ह्या घातक रोगाक आळाबंद हाडूंक घूड (कुकडांक दवरपाचो जागो) सदांच नितळ आनी सुको दवरूंक जाय. तशेंच ह्या रोगाचेर सल्फा आनी पेनिसिलीन ह्या सारकीं वखदां दितात.

कांय कुकडांक स्वास मार्गाच्या रोगाची सांथ लागता, तशेंच जाणट्या कुकडांक क्षयरोग जावं येता. ह्या रोगाची बादा न जावपाक 'जलगां' निवळशा घुडांत पोसूंक जाय. तशेंच पोरन्यो कोंबयो तांतयां घालूक लागतकच १ वर्सान विकूंक जाय. कांय कुकडांक कुकुडसो नांवाचो जीव लागता. अशे तरेचे रोग कुकडांक लागचे न्हय म्हूण कुकडांक दवरपाच्या जाग्यार लिंडेन, मॅलॅथिऑन वा हेर किटकनाशकांचो फवारो मारतात. तशेंच रोग जावंचे न्हय म्हूण फाव ती जतनाय घेतात.

कुकडांक फकत पोसपाखातीर लोक तांचो उपेग करना, तर कुकडांच्या मासापसून वेगवेगळे खावपाखातीर पदार्थ तयार करतात. चिकन कांदो, चिकन तोमात, चिकन बिरयानी, चिकन धंय, चिकन साय, चिकन सूप आनी सगळ्यांत म्हत्वाचो म्हळ्यार चिकन शाकोती. कोंकणांत चिकन शाकोती हो चिकनापासून केल्लो मुखेल पदार्थ आसा. देशांत आनी परदेशांतल्या हॉटेलांनी लेगीत चिकन शाकोती उपलब्ध आसता. तिच्या हे प्रसिद्धीक लागून हे कोंकणांतले चिकन शाकोतीक एक खाशेलें म्हत्व मेळला. हेभायर चिकन काफ्रियाल, लज्जतदार चिकन, चिकन राजपूत कडी, हवाई चिकन सालाद, कराय चिकन, चटपटा चिकन, चिल्ली चिकन, चिकन लॉलिपॉप, हाँग–काँग चिकन, ऍक्सोटीक चिकन, तंदुरी चिकन आदी हे आसात. देशी – विदेशी कुकडांच्या मांसापसून तयार केल्ले रूचीक पदार्थ.

कोंबो कोंबयेपरस दिसपाक सुंदर. हाचें कारण म्हळ्यार ताच्या माथ्यार शेंकरे आसता, गळ्याकडेन तांबडो पड्डो आसता, आनी ताचे आंग कचकचीत पाखांनी भरिल्लें आसता. ताच्या ह्या सुंदर रूपाक लागून कांय वर्सां फाटीं मातयेची कोंब्या शिल्पां तयार करतालें, आदल्या काळार फ्रिझ घेवपाची परिस्थिती लोकांकडेन नाशिल्ल्यान उदक थंड माठांत (आयदन) दवरतालें. अशा माठांमदीं कोंब्या तोंड–मान आनी पोटाचो आकार दाखोवपी माठ सर्रास वापरताले. कोंकणांत दर एका घरांत हो कोंबो (माठ) आसतालोच. घुमटाचो आकार दिवन ताच्या पोंदच्या भागाक बसका आसताली आनी वयलें तोंड उकते आसून ताचेर धापणें आसतालें. कोंबयाच्या गळ्याकडचो भाग तोंड आनी ताचें चोंचिकडचो भाग कोरीव काम करून चोंच उकती दवरून हें तोंड घुमटा आकाराचें तयार केल्ल्या आंगाक लायतालें आनी दुसरे वटेन ताका मूठ दवरताले. कोंब्यांतले उदक पेल्यांत रकोवपाक ही मूठ उपेगाक पडटाली. आनी कोंब्याच्या चोंचिंतल्यान उदक पेल्यांत पडटालें. अशी ह्या कोंब्याची रचना आशिल्ली. हालिंसारां ह्या कोंब्याचो उपेग चडसो जायना. हो कोंबो फकत जात्रा आनी फेस्त भरिल्ल्या मांडानीच पळोवंक मेळटा. अशेंच तरेन आदल्या तेंपार मोतसेपासून तयार केल्लें कोंब्याचें शिल्प घराच्या मुखेल दाराच्या वयल्या मुखेल पाख्यार बसयताले. अशे कोंबे बसयल्ले फकत आदल्या घरांचेर आनी कांय आधुनीक घरांचेर बसयल्ले आसात. इतलेंच न्हय, कोंब्याक हिंदू धर्मांत एक खाशेलें अशें म्हत्वूय आसा. कोंबो फांतोडेर

उठून, साद घालून लोकांक जाग हाडपाचो काम करता. देखून ताका सूर्याचो दूत मानला. कोंकणांत एक धार्मीक विधी म्हणून देव-देवताक (देवचारांक) कोंबयाचो बळी दिता. तसो बळी दिवपाचो नवसय करप जाता. तशेंच भुतां-खेतांची बाधा काडपाक कोंब्याचो बळी दितात. हो संबंध वेदकाळाइतला पोरनो आसा. अश्वमेघांत सवितृदेवतेखातीर कोंब्याक बळी दिवप, अशें सांगलां. कोंबयापसून खंयचे गूण घेवचे तें ह्या फुडल्या श्लोकांतल्यान सांगलां :

युद्धं च प्रातरुत्थानं भोजनं सह बन्धुभिः
स्त्रियमापद्‌गतां रक्षेत् चतुः शिक्षेत कुक्कुटात् ॥

अर्थ - युद्ध, फांतोडेर उठप, सगळ्या भावावांगडा जेवप आनी संकश्टान सांपडिल्ल्या बायलेचे रक्षण करप, ह्यो चार गजाली कोंब्यापसून शिकचे असो हो श्लोक सांगता.

कोंबो हो स्कंदाचे चिन्न अशें मानलां. कोंब्याचे झूज, कुक्कुटयुद्ध आनी उडतकोंबो हीं कांय खेळांची नांवां आसात. कोंब्या झूज हो एक लोकांचो आवडटो खेळ, आनी हो खेळ कोंकणांत आजुनूय खेळटात. ह्या खेळांत दोन कोंब्यांमदीं झगडें लावन दिता. पांयाक धारेचीं शस्त्रांलेगीत बांदता. ह्या झुजांत जो कोंबो फाटींसरून पळटा तो हारता. कांय वेळा अशा झुजांत कोंब्याक आपलो जीव लेगीत वगडावचो पडटा. आता अशा मोनजातिच्या झुजां खेळांचेर कायद्यान बंदी आयल्या. आदल्या काळांत सोरोप चाबल्यार, जंय चाबला त्या घायाक कोंबडे-पिलांची चोंच लायताले. कोंबडे पिलां वीख ओडून घेतात असो समज आसलो.

पुरक नोंद : कोंब्या झूज

– सं .मं.

कुक्के सुब्रह्मण्य : कर्नाटकाच्या दक्षीण जिल्ल्यांचे पूर्व दिकेक सह्याद्री पर्वतांचे रांकेंत कुमार पर्वत आसा. कुमारपर्वतांत उगम जावंन, सुब्रह्मण्य क्षेत्रांतल्यान व्हांवत नेत्रावती न्हंय मेळून, समुद्राक वचून मेळपी कुमारधारां न्हयचे देगेर कुमाराद्री म्हणून नांव जाल्ले एक क्षेत्र सुब्रह्मण्य क्षेत्र आसा. कुक्के गावांतल्या ह्या क्षेत्रांत सुब्रम्हण्यम देवाचें मुखेल देवूळ आसा. तशेंच कुक्के शीवलींग आसा. हें कर्नाटकांतल्या सात मुक्ती धामामदलें एक धाम आसा. कोल्लूर, उडुपी, कुंबासी, कोडेश्वर, शंकर नारायण आनी गोकर्ण हीं हेरा धामां आसात. हांगां पाटल्यांत (कुक्के) लींग पुजतात. ताचे वयल्यान ह्या गावांक कुक्के हे नाव पडलां आसू येता.

हांगा शृंगेरी मठ, कन्नडिसार (दर्पण तीर्थ) सुब्रह्मण्य मठाचे संपूट नरसिंह स्वामी देवालय आसा. भैरवलींग, सूर्य, अम्बीका, विष्णु, गणपती, महेश्वर (उमा महेश्वर), आदी देवस्थाना आसात.

सुब्रह्मण्य देवालयाच्या गर्भकुडींत फडानन सुब्रह्मण्य देवाची मुर्ती आसा. मदीं सात फोडां आशिल्लो नाग आनी ताचें पोंदा खूप नागा-फोडां आसात. दनपरचे पुजेमेरेन आनी दनपारच्या तीन वरांसांवन रातच्या आठ वरांमेरेन देवा-सेवा हांगा चलता. हातूंत अक्षयपात्र, मडेस्नान, मूलप्रसाद आदी प्रमूख आसात.

अक्षयपात्र – देड फुटी रुप्याची मूठ आशिल्ली आनी स फोडांच्या नागाचे आकृतिची भांगराची दाय म्हणजे हे अक्षयपात्र आसा. देवळांतले म्हापुजेउप्रांत पाकशाळेंत शिजयल्लें अन्न ह्या अक्षय पात्रांतल्यान भाविकांक निवेद्य अर्पण करतात. ह्या अक्षय म्हणजे जाका क्षय ना (नाश ना) अशा पात्रांतल्यान

(आयदनांतल्यान) प्राप्त जाल्लें अन्न हे अक्षय (सासणाचे) मानतात.

मडेस्नान – दनपारचे पुजेउप्रांत, जेवणाची पंगत जातकीर, उश्ट्या पानांचेर, जातीभेद करिनासतना होरळत सेवा (उश्टें अंगाक सारवप) करतात ताका मडेस्नान म्हणटात. अशें मडेस्नान केल्यार पाप–नाश तशें पिडा–नाश जाता अशें मानतात.

मूलप्रसाद – वर्सांतल्यान एक फावट गर्भकुडींतले जमनिंतल्यान मृत्तिका (माती) काडून तो देवाचो प्रसाद म्हण वांट्टात. हाचेभायर सतत प्राप्तीखातीर नागशिला प्रतिष्ठापना देवाच्या नवसान भुरगें जातकीर ताचें देवाच्या नावानं नामकरणविधी, मंगळार, शुक्राराची पुरुषराय (प्रतापशाली भूत क्षेत्र रक्षण कर्तो) हाची आराधना आनी म्हैसूर – संस्थानीक मुम्मडी कृष्णराज वडियार हाणें देवाक अर्पण केल्ल्या ब्रह्म – रथाचो रथोत्सव हीं हांगची आनीक मुखेल देवकृत्यां आसात.

– सिद्धापुर वासुदेव भट

कुगुळी : पळयात : कोगूळ

कुचो : मोर पांखाचो तुरो. बचकभर मोरपांखां घेवंन तांकां सुतान गांठावन सुमार दोन फूट लांबायेचो हो तुरो करता. मोरपांखांक धार्मीक आनी वैजकी गूण आसता अशें मानप जाता. गांवगिऱ्या वाठारांतले धार्मीक भोगावळी करपी, अंबाबाईचे भक्त वा पिराचे भक्त धार्मीक विधी करून तयार केल्लो कुचो भाविकांच्या आंगार भोंवडायता आनी तांच्यो इडा–पिडा नश्ट जावंच्यो अशें मागता. हेर धार्मीक वस्तीसारखो धार्मीक कुचो पवित्र मानता आनी ताचो योग्य रितीन सांबाळ करता. शारीरीक दुखापत जाता तेन्ना दुखापतिच्या आंगार मोरपांख बांदपाची रीत आसा. दुखापत निवारण करपाचो गूण मोरपांखांत आसता असो समज आसा. ह्याय संदर्भांतल्यान कुचाचो वापर करप जाता.

– सं. मं.

कुट्टरें : माथ्यार घालपाची एक वस्त. सरपळ्यो आशिल्ली ही वस्त, आंबाड्याचेर घालून आंबाड्याची तशी एकंदर माथ्याची सोबा वाडयता.

– सं. मं.

कुटुऱ्यांनी (लिपचेल्यांनी खेळ) (१)

: ल्हान भुरग्यांचो देशी खेळ. ह्या खेळांत विशेश नेम वा तंत्रीक गजाली चडशो नासतात. खंयच्याय घरांतलीं वा शेजाऱ्या – पाजाऱ्यांच्या घरांतलीं चले – चलयो वाड्यार, आंगणांत वा मेकळ्या जाग्यार हो खेळ खेळटात. खेळाची सुरवात 'राज्य' कोणाचेर हेप्रमाण थारता. कोणें राज्य घेवंचें हें थारावपाखातीर चुकप (चकणें) हो प्रकार करतात. तीन भुरगीं एकठांय हातांत हात घालून उबीं आसतात आनी 'एक, दोन, तीन' वा 'रामराय साय सुट्यो' म्हणटात. आनी तेचवांगडा दर एकलो आपले हात एकमेकाचेर उमथे घालतात. जांचे तळवे एकामेकाचेर आसात हो एक प्रकार आनी जांचे तळवे एकामेकांकडेन तोंड करून ताळी वाजयलेभाशेन आसात हो दुसरो प्रकार. तिगांमदल्या एकल्या ज्या गड्याचो प्रकार वेगळो आसता तो सुट्टा. पूण ताका 'जळ्ळा' अशें मानतात. ताणें परत उतरचें वा ताणें परत वांटो घेवंचो पडटा. जळ्ळ्याचो प्रकार टाळपाखातीर दोनूय हात

पांयांसकयल्यान काडपाची रीत आसा. जो सुटिल्लो आसा तो हेरांखातीर परत चुकूंक शकता.

जाचेर राज्य आयलां, ताका एक जाग्यार उबो करतात वा बसयतात. ताका बेबो म्हणटात. ताचें फाटल्यान उबे रावून एकलो ताचें दोळे घट धांपता. राज्य आयिल्ल्या खेळगड्यांचे दोळे धांपपी व्यक्तीक 'भोज्या' म्हणटात. बाकीचीं भुरगीं वा खेळगडी लिपूंक वतात. भुरगीं लिपलीं म्हणटकीर, दोळे धांप्पी सगळ्यांक आयकूक येतले अशेतरेन 'हातांत किदें?' अशें विचारता. दोळे धांपिल्लो 'मुदी' अशी जाप दिता. तेन्ना "चल बायलेचे सोदीक" अशें ताका

दोळे धांप्पी सांगता. राज्य आयिल्लो खेळगडी चली भुरगे आसल्यार, चल घोवा सोदीक" अशें सांगता. राज्य आयिल्ल्या खेळगड्याचे दोळे उक्ते करून लिपिल्ल्या भुरग्यांक सोदपाक सोडटा तो कोण कोण खंय लिपल्यात तें सोदून काडटा आसतना, लिपिल्ल्या दर एकल्यान ताका दिसनासतना ताणें आपल्याक आफुडचें पयलीं भोज्याक आफुडपाचें आसता. पुर्विल्लीं व्हडलीं कुटुंबां तशेंच व्हडले वाडे (घरां) आसताले. तातूंत आजघर–माजघर, पडवी, पडवेचेर खंय कुडें, गोणी, माळो अशे कितलेशेच जागे लिपपाखातीर आसताले. ह्या खेळांत राज्या आयिल्ल्या खेळगड्यान दोगां–तिगां जाणांक बाद केले, म्हळ्यार सोदून काडले जाल्यार ते बाद जाले तांचीं नांवां गुप्त दवरून 'कुणी घेयात चंद्र, कुणी घेयात सूर्य, कुणी ध्रुव' अशी तांची मागणी करतात. ज्या नांवांविशीं मागणी जायना तांचेर राज्य येता आनी परत खेळ सुरू जाता.

अशेंच कुटुऱ्यांनी खेळपाच्यो आनीकय पद्धती आसात :

कटुऱ्यांचो खेळ (२) : ५ ते १२ वर्सां पिरायेच्या चले आनी चलयांनी हो खेळ खेळूं येता. बेब्याचे दोळे लेंसान बांदप अशी एकूच नेम आनी अट आसा. हो खेळ घरांतलो आनी सांघिक. ह्या खेळाक काळ लागना. केन्नाय आनी खंयच्याय वेळार हो खेळ खेळल्यार जाता.

खेळपाची रीत : बेब्याच्या दोळ्यांक लेंस बांदप. उपरांत ताणें हेर वांगड्यांक हात मुखार करून सोदप. जर एकादें भुरगें ताका सापडलें जाल्यार ताणें त्या

भुरग्याचें नांव सांगप. जर बेबो वळखुपाक नापास जालो जाल्यार ताकाच परत बेबो जावंचे पडटा.

कुटुऱ्यांचो खेळ (३) : चडकरून ८ ते १५ वर्सां पिरायेच्यो चलयोच हो खेळ केळटात. बेब्यान दोळे बंद करप, टिचकी मारल्या उपरांतच बेब्यान दोळे उक्तें करप.

खेळपाची रीत : बेब्यान आपले दोळे बंद करप आनी गीत म्हणप :

"कोणी तरी यावे
आणि टिचकी मारून जावे."

हें पद म्हणटकीच एकल्यान येवप आनी खंयच्याय एका भुरग्यान मुखार येवन बेब्याच्या कपलार टिचकी मारून आपल्या सुवातेर वचून बसप. बेबो भुरग्यान टिचकी मारिल्ल्या भुरग्याचें नांव सांगप. अचूक नांव सांगल्यार टिचकी मारपी बाद जाता आनी चूक सांगल्यार परतून तोच बेबो जाता.

कानकुटुऱ्यांनी (४) : ९ ते १४ वर्सां पिरायेच्या चले आनी चलयांनी हो खेळ खेळूं येता. ह्या खेळांत सगळ्यांनी वर्तूळ करूनच बसप, एकामेकांच्या कानांत सांगप, एकट्यान फक्त एकदांच एकट्याच्या कानांत सांगप आनी जें आयकुपाक येता तेंच सांगप अशें कांय नेम आनी अटी आसात. हो खेळ घरांतलो आनी सांघिक घरांत वा आंगणांत हो खेळ खेळूं येता. खेळाक काळ लागना. केन्नाय आनी खंयच्याय वेळार हो खेळ खेळल्यार जाता.

सगळ्यांनी वर्तूळ करून बसप. कोणेंय एकल्यान आपले कुशीक बशिल्ल्याच्या कानांत कांय उतरां सांगप. तींच उतरां दुसऱ्यान मागीर आपले कुशीक बशिल्ल्याच्या कानांत सांगप. अशेतरेन एकट्यान दुसऱ्याक, दुसऱ्यान तिसऱ्याक, तिसऱ्यान चवथ्याक अशें सांगीत रावप. अशेतरेन निमाणो जो उरता ताणें मात आपणाक जें कितें आयकुपाक आयला तें मोट्यान सांगप. ताणी सांगलें उपरांत मागीर पयलो जो सांगपी आसता ताणी मुळावें वाक्य सांगप. मागीर निमाणो जो आयकुपी आसता ताचेमेरेन पावसर मूळ वाक्यांत कितलो बदल घडटा तें पळोवप. आनी अशेतरेन ह्या खेळाची मजा चाखप.

कुटुऱ्यांनी खेळ (५) : कुटुऱ्यांनी खेळ खेळपाक वयाचे बंधन आसपाक जाय अशें ना. हो खेळ एक आवय आनी सात - आठ म्हयन्यांचे भुरगें हांचेमदीं लेगीत खेळिल्लो दिश्टी पडटा. एकाद्रें भुरगें रडत जाल्यार ताका थारावपाखातीर आवय जायते प्रयत्न करता. पूण तातुंतले तातूंत तिका सुचले जाल्यार ती आपले दोनी हातांनी वा एका कपड्यान आपलें तोंड लिपयता, 'कुटुऱ्यो' अशें म्हणटा आनी लिपयल्लें तोंड भुरग्याक दाखयता. अशेंच ती साबार वेळार करता. हाचेर भुरगें रोकडेंच हासपाक लागता आनी रडिल्लें थारता आनी अशें तरेन तें भुरगेंय आपले आवयकडेन कुटुऱ्यांनी खेळपाक लागता.

कुटुऱ्यांचो खेळ (६) : ५ ते १२ वर्सां पिरायेच्या चले आनी चलयांनी हो खेळ खेळूं येता. ह्या खेळांत बेब्याक उबो रावपाक एक वर्तूळ काडप, बेब्यान लिपतल्याक पळोवंक फावना, टिपो घालतल्यान वर्तुळांतूच येवन टिपो घालप अशें कांय नेम आनी अटी आसात. हो खेळ मैदानी, सांघिक. तो चडकरून सकाळचे वा दनपारचे वेळार खेळटात.

खेळपाची रीत : १०, २०, ३० ते १०० मेरेन आंकडे (नंबर) घालप. ज्या भुरग्याचेर शंबर आंकडो येता तो सुट्टा. निमाणेमेरेन ज्या भुरग्याचेर शंबर आंकडो येना तो बाद थारता आनी बेबो जाता. बेब्यान आपल्या वर्तुळांत उबे रावन दोळे धांपप. बाकीच्या गड्यानीं आडस आशिल्ल्या जाग्यार

लिपप. लिपिल्ल्या भुरग्यांनी कुटुऱ्यो म्हणले उपरांत ताणें तांकां सोदपाक वचप. बेब्यान चड पयस वचूंक फावना. कित्याक तर जर तो चड पयस गेलो जाल्यार लिपिल्लीं भुरगीं सहजतायेन टिपो घालपाची शक्यताय आसता. बेब्यान दुसऱ्या भुरग्याक टिपो घालूंक दिवप नासता. जर कोणूच टिपो घालूंक शकलो ना जाल्यार पयलीं सोदून काडिल्लो गडी दुसरें फेरयेंत बेबो जाता. (टिपो घालप म्हळ्यार लिपलेल्या मनशान बेब्याची नदर चुकोवन वर्तुळांत येवन ते सुवातेक स्पर्श करप आनी तोंडान 'टि ऽऽ पो' अशें म्हणप)

– सं. मं.

– एन्. सुहास

कुड्डूक : (संस्कृत – भुरूंडी, गुजराती – लाबंडी, कन्नड – गोरंजि, मराठी – कुरडू, हिंदी – सफेद मुर्धा, लॅटिन – सेलोशिया अर्जेन्शिया (Celosia argentea).

ही एक रानभाजयेची वनस्पत. चड करून पावसाच्या मोसमांत शेतांनी तशेंच शेतालागच्या हेर सुवातिंनी ही वनस्पत दिश्टी पडटा. हाचें खोड आनी खांद्याक उब्यो शिरो (पनेळ) आसता. हाका सादी एकाआड एक पानां येता. सप्टेंबर – डिसेंबर ह्या काळांत कुड्डूकेच्या झाडांक पयलीं गुलाबी आनी मागीर धव्या रंगाचीं फुलां फुलिल्लीं दिश्टी पडटात. हीं फुलां १–३ इंच लांबायेची आसता. ह्या फुलांनी काळ्यो चकचकीत बियो आसता. हीं फुलां एकठांय बांदून तांचे गोंड गौरीक घालतात, आयतारा पुजेक ओंपतात तशेंच चवथीक माटोळेक बांदतात. पंचमी दिसा म्हळ्यार चवथिच्या दुसरे दिसा हाची पालेभाजी करतात. ही भाजी पुश्टीक आसता. फुलां फुलतकच कुड्डूकेची पालेभाजी करनात. कुड्डूकेच्या फुलाक 'कवडेफूल' अशेंय म्हणटात. प्ल्युमोजा आनी क्रिस्टॅटा – मोरशिखा ह्यो कुड्डूकेच्यो दोन जाती. घराच्या आंगणांतली सोबा वाडोवपाखातीर ह्यो दोन जातींतल्या कुड्डूकेची झाडां रोयतात. तांबड्या जातीची फुलां दिवपी कुड्डूकेक 'देवकुड्डूक' म्हण्टात. पातळ परसाकडे, रक्तशुद्ध, तोंडफुटप, दोळ्यांविकार, मूतखडो तशेंच हेर विकारांचेर कुड्डूकेच्या बियांचो वखदी उपाय करतात. अशे उपाय जाणकाराचो सल्लो घेवन करचे.

– सं. मं.

कुडाळदेशकर गौड ब्राह्मण : पळयात – समाज – कोंकणी

कुडी : पळयात : कुडें

कुडें – कुडी (गुडें – गुडी) : आंगण, खळें पोरसू वा गोरवां – गोठ्यालागीं उक्तें सुवातेर पुरुमेंताखातीर सुकें तण सांबाळून दवरपाची वेवस्था. भात – मळणी जातकीर, मेळटा तें तण एकठांय करून ताची रास वयले सुवातेर एका ल्हानशा झाडाच्या खोडा भोंवतणी उबी करता. जंय अशें झाड उपलब्ध नासता थंय लाकडाचे मेडी भोंवतणी तणाची रास उबी करता. अशी रास उबी करून फुडाराखातीर गोरवांच्या खाणाचो पुरुमेंत (सांठवण) करून दवरतात. भाताच्या तणासारकेंच करडाच्या तणाचेंय कुडें उबारता. तणाचें कुडें (रास) उबारपाची एक खाशेली



पद्दत आसता. ज्या झाडाचो – मेडीचो आदार घेवन ही रास उबारता त्या आदाराक तणाचें पातयेकडलें तोंक घुस्पून उरता आनी देंठाकडलें तोंक मेकळें उरता. ही रास वाटकुळ्या आकाराची आसता आनी तिचो जमनिवयलो घेर रुंद आसून, वयलो घेर अशीर जायत वता. हे रचणुकेक लागून कुड्यांतलें तण जाय तितकेंच घेवपाक मेळटा आनी पावसाचें उदक कुड्याच्या आंगावयल्यान निसरून वता आशिल्ल्यान भितल्लें तण सुकें उरता. राशिच्या जमनिवयल्या भागाच्या तणापासून तण काडपाक सुरवात करता. पावसाळ्यांत, विशेश करून उटांगराच्या पावसांत जेन्ना गोरवां गोठ्या भायर चरूंक वचूंक पावना तेन्ना तांकां कुड्याच्या तणाची खावड घालता. मेडी भोंवतणी कुडें घालता ताचो सकयले वटेनचो भाग जमनीक तेंकता आशिल्ल्यान मेळत तेन्ना ताका गोरवांनी खावचें न्ही म्हणून कुड्याभोंवतणी आडो उबारता. गोरवांच्या तोंडाक लागचें न्ही म्हणून कांय जाण कुडें माथेंभर उंचायेच्या कोंड्यांच्या माळ्याचेर उबें करता. जशी जशी तण काडपाची सुवात वयर वयर पावता तशी वयले सुवातेंतलें तण काडूंक निसणीचो आदार घेवप जाता.

– सं. मं.

कुडो : एक वनस्पत. वृक्षक, शक्र, वत्सक, कुडा, कूटज आदी नांवांनी ह्या झाडाक वळखतात. सुमार २ ते ३ मिटर उंचायेमेरेन तीं वाडटा. कुड्याची पानां पोपटी रंगाची आसता आनी तांची लांबाय १२ ते १५ सेंमी. आसता. तीं तोकाद आनी तुकतुकीत आसतात. हीं पानां खांद्येर एकामेका सामकार आसतात. तशेंच, ह्या खांद्येचे तेंगशेर कळ्यांचो घोंस येता. ह्या कळ्यांक ल्हानसोच देंठ आसता. त्या देंठार पांच पाकळ्यांची, धव्या रंगाची, मंद अशा परमळीत वासाची ल्हान ल्हान, नाजूक फुलां घोंसान फुलता. अशेच, एकावेळार खुबशे घोंस फुलतात. अशावेळार पाचव्या पानांमदीं फुलिल्ल्या धव्या फुलांक लागून हें झाड पळोवपाक आनिकूय सुंदर दिसता. घोंसाक फुलिल्लीं, आदलीं धवीं फुलां, हळडुवीं पडटात, त्यावेळार ह्या धव्या आनी हळडुव्या फुलांचे घोंस, वेगवेगळ्या रंगाच्या फुलां–तुऱ्यासारकें दिसतात.

गिमांत ह्या झाडांचो चड भार आसता, तो पावस सोपमेरेन उरता. हीं झाडां चडशीं रानांनी जाता.

ह्या झाडाचो तसोच फुलांचो व्हडलोसो उपेग जायना. ह्या झाडाची पानां सुकोवन, तातूंत तंबाखू भरून, बारीक वळोवन विडयो करतात. सुकिल्ल्या पानांच्यो शिरो सोडून, दोनय वटयां पानाचे जाय तेदे कुडके कातरीन कातरून घेतात. ते मागीर उदकांत

भिजयतात. उदकांत भिजतकर ते जाय तशे मोव जाता आनी विडयो वळूंक सोपें पडटा. ह्या कुडक्याक शेनत म्हणटा.

– सं. मं.

कुणकेश्वर : श्रीक्षेत्र कुणकेश्वर : सिंधुदुर्ग जिल्ल्यांतल्या देवगड तालुक्यांतलें एक मुखेल तीर्थस्थळ. दर्या देगेर वसिल्ल्या ह्या देवळाचो परिसर सुंदर आसून, भावीक, तशे पर्यटकांखातीर तें एक आकर्शण जालां. देवगडापासून १५ किलोमिटराचेर आशिल्लें हें देवूळ ११०० सालांत देवगिरीच्या यादवांनी बांदलां आसूं येता अशें इतिहासकारांचें मत आसा. ह्या देवळाचेर दक्षिणात्य स्थापत्यशास्त्राचो प्रभाव दिसता. तशेंच बांदकामाखातीर व्हड आकाराच्यो फातरी वापरिल्ल्यो आसात. छत्रपती शिवाजी महाराजान ह्या देवळाचो जिर्णोद्धार केल्ल्याचे संदर्भ मेळटा. सुमार पाऊण एकर जमनीर पसरिल्ल्या ह्या देवळाचे पश्चमी दिकेक, दर्यावटेन गडगंज तटबंदी उबारिल्ली आसा. महा शिवरात्रीक हांगां व्हडली जात्रा भरता आनी कोकणांतले तशे घाटावयले भावीक व्हडा संखेन हांगा देवदर्शन घेता.

– सं. मं.

कुणबी : पळयात : समाज – कोंकणी

कुणबी नाच : 'कुणबी' ह्या उतराचो अर्थ शेतकामती असो जाता. आनी ह्या उतराक पर्यायी अशीं कुळंबी (वेळीप, गांवकार), कोंकण गावडे, ख्रिस्ती गावडे हीं उतरां गोंयांत घोळटात. मात्र सद्या तरी हो लोक एकाच वंशावळीचो आसुनूय इतिहासीक कारणाक लागून भुगोलीक घडणुकींक लागून, समाजीक परिस्थितीक लागून तांच्यो जिणे पद्धती आनी रिती रिवाज, तेचपरी देव दैवतांय वेगळीं वेगळीं जाल्यांत.

ताकाच लागून तांच्या लोकनाचाच्या पद्धतिंनी आनी शैलींनी वेगळोचार दिसता. देखीक, कोंकण्या गावड्यांचो जागरांतलो लोकनाच आनी ख्रिस्ती (किरिस्तांव) गावड्यांचो जागरांतलो लोकनाच हातूंत फरक दिश्टी पडटा. तेचपरी कुळंबी (वेळीप, गांवकार) समाजांत शिगमो, घालो वर्सासनाप्रमाण जाता, पूण तांचेमदीं 'जागर' हो नाच – नाटकाचो प्रकार नासता. (तांचेमदीं गुडुल्यां गायन, बाशी पुनवेचें बासंगो राजाचें गायन, गावन काणी बी आसता). बायालांचो धालां – नाच एकसारखोच आसलो तरी गावपाची शैली आनी उरतांचे हेळे वेगळे वेगळे आसतात.

फाल्गुन शुद्ध दसमीसावन पुनवे पयल्या दिसा – चतुर्दशी मेरेन चलपी शिगम्यांक चौरंग / जत, तोणयांमेळ, तालगडी, गोफ आनी कांय कडेन दिवल्यां नाच अशे तरेकवार खेळ / नाच जातात. खेळगडे कासाटो मारून पुडवें / धोतर न्हेसतात, पैरण / शर्ट घालतात, तकलेक मुंडासो बांदतात. तातूंत आबोल्यांचो झेलो खोयतात. न्हवरे तुरे घालतात. सगले खेळगडे अळंकार घालतात. तोणयांमेळांनी खेळटना रंगीत तोणयो आनी तालगडी खेळटना रंगीत लेंस हातांत घेतात. धोल, ताशे, जगांटी, कासाळीं, घुमटां बी वाद्यां वाजयतात. हो धाकलो शिगमो– आनी पुनवेन सुरू जावन पाडव्यादिसा सोंपता तो व्हडलो शिगमो. कुणबी समाजामदींय चलता. अंत्रूज म्हालांत

'रोमट' चड गाजता. हातूंत नाचापरस आकांताच्या वाद्यांच्या वाजपाक आनी गुडयो, अबदागिरी, चंवरां, सत्र्यो, सूर्यपान, तोन्न अशा लवाजम्याक म्हत्व आसता, 'ओस्सय, ओस्सय' चो जयघोश आसताच!

बायलो पौष म्हयन्यांत पुनव धरून कृष्ण सश्टीमेरेन धालो मांडार धालो खेळटात / नाचतात. आतां गांवांनी ह्या धालांक उत्सवा इतलेंच विधीचेंय स्वरूप येता. 'श्री धालो गे धालो, धालांनी खेळूं या गे धालो, धालांनी खेळूं या' अशा गीतान धालो सुरू जाता. धालांचीं गाणीं गांवच्या मूळ देव दैवतांकडेन आनी सैम – वाठाराकडेन संबंदीत आसतात. कुळंबी समाजाच्या बायलांचे न्हेसप 'देठली' घालून केल्लें आसता. गळ्यांत गळोभर गळसऱ्यो आनी हातांनी हातभर वाळे / पितळेचीं कांकणां तशेंच माथ्यांनी आबोल्यांच्यो फांतयो आनी पात माळिल्ली आसता. मांडावयल्या खेळांनी चडशे मोरूलो, घोणे पिलां, पिंगळी न्हवरो – व्हकल, गणसा बैल, घाडी खुदोवप, आमयो आदी प्रकार आसतात. तेंचपरी बायलो नाचत – गायत वेगळ्यो वेगळ्यो फुगड्यो खेळटात. तातूंत उब्यांनी खेळपाच्या फुगड्यांप्रमाण बसक्यो फुगड्योय आसतात.

असेच तरेचो नाच गोंयच्या पोरण्या काबिजादींतल्या (साश्ट, तिसवाडी, बारदेश आदी) ख्रिश्चन कुणबी गावड्यांच्यो बायलो करतात, ताका 'कुणबी नाच' अशें नांव पडलां. हातूंत विधी नासतात, जाल्यार

फकत उमेदीन केल्लो नाच आसता. काजारांउपरांत वा शेतां लुंवून बी जालीं म्हणटकीर खळ्यांनी बायलो हो नाच करतात. हांगा बायलो नाचतना कुशीक कांय बायलो आनी कांय दादले गायत, वाजयत तांकां साथ दितात. दोन – तीन घुमटां, म्हादळें, झांज अशीं वाद्यां साथीखातीर आसतात. गाण्यांचे विशय चडशे समाजीक आसतात.

केपेंतल्यो ख्रिश्चन गावड्यांच्यो बायलो मात धालो – फुगडी खेळटात / नाचतात. आतां नाचतनाची पावलट (पदन्यास) कोंकण्या कुळंबी समाजापरस थोडी वेगळी आनी दादलेकुऱ्या बाजाची / थाटाची आसता. ख्रिश्चन कुणबी गावड्यांच्या बायलांच्या धालांनी वळींचे विंगड विंगड प्रकार दिश्टी पडटात, तशेंच गोलायेन नाचपय प्रकार दिश्टी पडटात.

– कमलाकर म्हाळशी

कुणबी साडी : कुणबी नाचांत हेर गजाली वांगडा कुणबी लोकांचें न्हेसण हें एक खाशेलें दायज आसा. विशेश करून कुणबी बायलो न्हेसता ती कुणबी साडी हें एक खाशेलें न्हेसण आसा. पाटा-पाटांच्या कुणग्यांची (चवकोनाची) ही साडी कमराभोंवतणी वाटकुळी न्हेसतात आनी तिचो सकलो कांठ पावलांवयर थोडे उंचायेर उरता. गोंयचे नामनेचे फॅन डिजायंरन वॅन्डल रोड्रीग्स हाणे, कुणबी साडयेक झेता च्या भेसांत (फॅशन शोंत) मॉडेल रँपाचेर हाडून तिचें जागतीक मार्केटींग करपाचें थारायलां. अशें जालें तर, सद्याच्या फॅशनेबल वस्त्रांनी फाटीं उरिल्ली ही हातमांगाचेर तयार जावपी साडी, एक फॅशनेबल वस्त्र म्हणून मुखार येतली.

– सं. मं.

कुतरो (सुणो) : स्तनि – वर्गाच्या मांसाहारी गटांतल्या कॅनिडी कुळांतलो कॅनिस वंशाचो प्राणी. इंग्लिशींत ताका 'डॉग' अशें म्हणटात.

कुतरो हो लांडगो, कोलो हांच्या आकाराचो आसून, ताचे कुडीची रचणूक आनी सांगाडो हातूंत सारखेपण आसा. मजबूत हाडां आशिल्ली ताची घटमूट कूड मात्शी लानशी आसता. कांय सुण्यांची

शेंपडी वयले वटेन वाटकुळी जाल्ली आसता. तर कांय सुण्यांची नीट आसता. तो आपल्या पावलांचेर नेट दिवन चलता. ताच्या फाटल्या पांयाच्या चपक्याक चार आनी फुडल्या पांयांच्यो चपक्याक पांच बोटां आसतात. ताच्या दातांची वट्ट संख्या बेचाळीस आसा. सकयले वटेन रुंदशे कान, वयलेवटेन अशीर आनी तोंकाचे जाता. कुतरो हो प्राणी शाकाहारी तसो मांसाहारी आसता. आतां कुतऱ्यांखातीर खाशेली तयार केल्ली खाणां तशीं वखदां बाजारांत उपलब्ध आसात.

पुरापांशाण युगांतल्या पन्नास हजार वर्सां आदल्या

गुहांतल्या कोंत्रातल्ल्या चित्रकामांत शिकारी मनशाच्या शेजराक कुत्र्याच्यो वांकड्यो तिकड्यो आकृत्यो सांपडटात. वैदीक वाङ्मयांत सुण्यासंबंदीचे उल्लेख महाभारतांत मेळटात. युद्धिष्टिरावांगडा इंद्राचो सरभा नांवाचो सुणो आसलो. वेदाकाळांत कांय कारणाक लागून सुण्याक अपवित्र मानलो तरी मुखार धार्मीक आनी सामाजीक दृश्टीन ताका कमी लेखिनासतना श्री दत्तात्रेयाच्या सान्निध्यांत ताका स्थान दिवपांत आयलें.

सुण्याचीं उत्पत्ती लांडग्यासांवन जाली आसुंये अशें मानतात. पुर्विल्ल्या काळासावन सुणो हो मनशाचो सांगाती आसा. सुरवातिचे रानटी अवस्थेंत मनीस उज्याचेर मांस शिजयतालो तेन्ना त्या मांसाक सुटपी वासाक लागून सुणो ताच्या म्हऱ्यांत येवन रावलो अशे मानतात. मनीस ताका मांस दिवंक लागलो. मुखार तो मांस मेळोवपाखातीर मनशाक आदार करपाक लागलो आनी मनशाचो इश्ट आनी चाकर जालो, अशें पुर्विल्ल्या अवशेशांवयल्यान दिसून येता. मनशाचीं कामा करपाक, शिकपांत कुतरो हो प्राणी हेर प्राण्यांपरस मुखार आसता. ताच्या ह्या गुणाक लागून कुतरो हो खूप आदीसावन पोशिल्ल्या मोनजातींमदलो एक आसा. सुणो हो प्राणी चडकरून मनशां आसतात थंय रावता. तेभायर मनशांय ताका आपल्या फायद्याखातीर पोसतात. पोशिल्ल्या सुण्यांचे जांतीक कॅनिस फॅमिलिॲरिस ह्या जातिविशिश्ट नांवान वळखतात. सुण्यांच्या रानवटी जातींमदीं ऑस्ट्रेलियांतल्या डिंगो, आफ्रिकेंतले केप हंटींग, अमेरिकेंत कॅरॅसिसी, भारतांत ढोले आनी चीनांतली रॅकून ह्या जातींचो आस्पाव जाता. एका कुळांतले पूण हवामान, अन्न प्रकार आनी संकर जनन हाकालागून सुण्यांच्यो वेगवेगळ्यो जाती अस्तित्वांत आयल्या तातूंत विसाव्या शेंकड्यांत आनीक भर पडून तांचो आंकडो वाडत आसा. जगांतल्या सगळ्या सुण्यांच्या जातींची संख्या चारशेंच्या लागीं आसा असो अदमास आसा. आकार, वजन, रंग, सया, केंसांची लांबाय, सभाव वैशिश्ट्या हांकां लागून जातींत वेगळेपण सांपडटा. सामान्यपणान शिकारी आनी बिनशिकारी अशे दोन वर्ग आसतात.

सुण्याक दैहिक, पाकृतीक आनी संसर्गजन्य रोग



जाता. डिस्टेंपर, सांसर्गीक, यकृतशोथ, अलर्क रोग (पिशें लागप), नृत्यवात, सुण्यांचो उन्माद, लेप्टोस्पायरोसिस किट्टी जन्य जोर, कृमिजन्य अशे तरेचे जायते रोग सुण्यांक जातात. पिसावल्लो (रॅबीज जाल्लो) सुणो चाबत जाल्यार भलायकेक सामकें अपायकारक जाता. वेळार उपाय केलो ना तर मनीस मरपाक शकता. तेखातीर पाळीव सुण्याक थारावीक काळांत रॅबीजा आडचीं इंजेक्शनां दितात.

शिकारेच्या कामांत सुण्यांचो वेगवेगळे तरेन उपेग जाता. हाउंड जातीचे सुणे जमनिवयल्या सस्तन

प्राण्यांच्या वासावयल्यान शिकार करपाक, ब्लड हाउंड हे जातींतले सुणे खूब वरां पयलीं ते वटेन गेल्ले सावदाची वासान फाट धरतात. सुकणीं मारपाक वा धनयान मारिल्लीं सुकणीं हाडपाक रिट्रिव्हर जात, बहिरी ससाण्याच्या शिकारेखातीर स्पॅनियल सुणो, झडप घालपाक टेरिअर सुणो उपेगी पडटा.

सुण्याचीं वास घेवपाची घाणेंद्रियां तीक्ष्ण आशिल्ल्या कारणान विशेश शिक्षण दिल्ल्या सुण्यांचो गुन्यांवकाराक सोदून काडपाक, मालमत्तेची राखण करपाक, गोरवांचे, मेंढरांचे कळप राखपाक, धनयांचे आज्ञेप्रमाण एका विशिश्ट जाग्यार एकठांय हाडपाक डोबरमन हे जातीचो उपेग जाता. बर्फाळ प्रदेशांत गाड्यो ओडपाखातीर, कुड्ड्यांक मार्ग दाखोवपाखातीर, संशोधन कार्यांखातीर, अनुवांशिकता आनी सभाव वैचित्र्य हांच्या अभ्यासाखातीर तशेंच वैद्यकीय उपचारात्मक संशोधनांत सुण्याचो उपेग करपांत आयला. मनोरंजन करपाखातीरय सर्कशींत कुतऱ्यांच्यो कसरती आसता. खाशेल्यो कुतऱ्यांच्यो धांवपाच्यो सर्ती आयोजीत करता. सिनेमांनी कांय कुत्र्यांचो कलात्मक रितीन वापर करप जाता. चोरांपसून घर राखण करपाखातीर सर्वसादारण घरांत सुणो पोसतात. हालिंच्या काळांत एक फॅशन म्हणून निरुपयोगी कुतरे पोसतात. हे कुतरे सोबीत आनी नाजूक आसतात आनी ते वांगड घेवंन भोंवतना तांचें प्रदर्शन करपाच्या हेतान तांकां सांबाळटा. प्रदर्शनाभायर अशे कुतरे मालकाच्या आनी खंयच्या कामाखातीर उपेगाक पडना. अशा कुतऱ्यांचीं सोबितकायेविशयीची सार्वजनीक प्रदर्शना आनी सर्ती घडोवन हाडटात. कुतरो हो मालकाकडेन सदांच प्रामाणीक रावता आनी ताचेकडेन केन्ना पडमूरपण करिना जाल्ल्यान, ते संबंधी एक म्हण्णी समाजांत घोळटा ती अशी,

संसारातलो सगळ्यांत उंच कुतरो. (सात फुट तीन इंच) अमेरिकेंत असा.

''मनीस मनशाकडेन पडमूर (बेईमान) जायत, कुतरो केन्ना जावचो ना.'' कुतऱ्याच्या खंयच्याय आंगाक दुखापत जाली म्हणटकीर तो आपलो फाटलो दावो पांय उबारून, कुंटत कुंटत आनी तेच वेळार किंळांच मारीत धांवता. ताचे हे कृतीवयल्यान, 'खंयूय मार, कुतरो दाव्या पांयार कुट्टा' अशे म्हणटा. हेंच म्हण्णीवयल्यान खंयचोय मनीस जर कसल्याय प्रसंगाचेर वा घडणुकिचेर एकूच वा आपलोच मुद्दो मांडूक लागलो तर तो 'दाव्या पांयार कुट्टा' अशें म्हणटात. कुतरो आनंदीत जालो तर तो आपली शेंपडी दावे – उजवे वटेन हालयता. पूण जर तो भियेल्लो आसत तर तो आपली शेंपडी फाटल्या दोनूय पायांमदीं घेता. हाचेवयल्यान कोणय मनीस

जर कसल्याय धाडसावयल्यान फाटीं सरलो तर 'ताणें शेपडीं भोंकांत घाली' अशें म्हणटात. भोंकता तीं सुणीं चाबना. मुमकीं सुणीं चाबता असो तांचो सभाव आसा. ह्या सभावाक धरून जो मनीस फुशारको मारता पूण ताच्या हातांतल्यान कांय घडना तेन्ना ताका 'भोंकता तीं सुणी चाबना' (barking dogs seldon bite) अशी ओपार मारता. चडशा कुतऱ्यांच्यो शेपड्यो तोंकाकडेन कवळिल्ल्यो आसता. त्यो केन्ना सरळ जायना. त्यो कोणेनय सरळ केल्यो तरी तिका सदळ करिनाफुडें आसली तशी वांकडी जाता. हाचेवयल्यान 'कुतऱ्याची शेंपडी वांकडी ती वांकडी' वा 'नळयेंत घाली तरी कुतऱ्याची शेंपडी सरळ जायना' अशी ओंपार मारता.

कोलसुणो : भारतांतल्या रानांत कोलसुणे पळोवंक मेळटात. क्युऑन अल्पिनस हें ताचें शास्त्रीय नांव. हाची लांबाय सादारपणान ९० सेंमी. हो खूब केंसाळ प्राणी आसून ताचें वजन २० किग्रॅ. मेरेन आसता. हो प्राणी मानशाळिल्ल्या सुणेंवरीं दिसता. ताचें शरीर लांबशें आनी लांडग्यावरी सडपातळ आसता. ताचे पांय आनी जबडो कांय प्रमाणांत अशीर आसता. गावठी सुण्यापरस हाका एक एक दाड उणी आसता. भारताच्या द्विपकल्पांत ताचो रंग तपकिरी आसता. हें रानसुणें चडकरून कळपांनी रावता. हातूंत जायतीं कुटुंबां आसतात. ताका लागून तांची टोळी जाता आनी ते सगळे मेळून व्हड प्रण्यांची जशी मेंढरां, हरणां, म्हशी, रानदुकरां, चित्ते, अश्वल, वाग आदी शिकार करपाक शकता. वासाच्या आदारान ते आपले भक्ष्य सोदतात. हांचो विशेश अशा कामांत उपेग जायनात.

– सं. मं.

– डॉ. विलास एम्. नायक

कुतल्ल (उडयी) : भात कापणी जालेउप्रांत, भताचीं कणसां आशिल्ल्या थामाच्या (भाताच्या रोपाच्या) बांदिल्ल्या चुडयांची केल्ली वाटकुळी रचणूक. ताका उडयी अशेंय म्हणटात.

भात कांपणी जातकीर कणसांच्यो चुडयो बांदून त्यो शेतावयर हाडून, शेताकुशिचे उक्तें सुवातेर (भाटांत वा वाटे-कुशीक) एकार एक करून गोलाकार दाळतात. जंय हें दाळप जाता ते उक्तें सुवातेक खळें म्हणटात. ह्यो चुडयो अशे तरेन दाळता की तांचीं कणसां भितरले वटेन आनी देंठ भायलेवटेन उरता. भितरले वटेन कणसां दाळटना, कणसाक कणस तेंकनासतना, कणसांमदीं एक गोलाकार मेकळी सुवात तयार जाता. कणसांभितरलेवटेन उरलीं की तीं जनावरांपासून सुरक्षीत उरता. भात मळणेवेळार ह्यो चुडयो थोड्या थोड्या प्रमाणांत कुतुल्लाभायर काडून हातरेर दवरून पांयांनी वा गोरवांच्या गेतांपोंदा पिसडून, भाताचे आंशे वेगळे करतात.

ह्या कुतल्लाचे संदर्भ आशिल्ली आनी भावा-भावांमदलें आपलेंपण सांगपी एक लोककथा प्रचलीत आसा. बापूय मरतकर, बापायन सांगून दवरिल्ल्याप्रमाण, दोगय भावांमदीं शेताची वाटणी जाता. वांटणेप्रमाण भाताचीं दोन सम समान कुतल्लां दाळटात. रातीकडेन व्हडलो भाव चिंतता. आपूण व्हडलो, आपले लग्नकार्य जालां, तो धाकटो ताचें सगळें जावपाचें आसा. म्हजेपरस ताका आतां चड धन-धान्याची गरज आसा. हें चितून तो उठ्ठा, खळयेंतल्यान कुतल्लांकडेन वता आनी आपल्या कुतल्लांतल्यो वेंगभर भाताच्यो मोळयो धाकट्या भावाच्या कुतल्लाचेर पसरिता, आनी घरा येवन न्हिदता. दुसरेवटेन धाकटो भाव चिंतता आपूण धाकटो, आपणाचेर व्हडलिशी जापसालकी ना. तो

व्हडलो. बायल – भुरग्यांकार. ताका चड धन – धान्याची गरज आसा. अशें चिंतून तो उठ्ठा आपल्या कुतल्लाकडेन वचून वेंगभर मोळयो उखलता आनी त्यो व्हडल्या भावाच्या कुतल्लाचेर पसरिता. सकाळीं जेन्ना दोगय भाव खळ्यांत पावता तेन्ना तांकां दोनय कुतल्लां आदले दिसा सारखींच सम–समान दिसता. दोगांकूय पयली अजाप दिसता. पूण उप्रांत तांकां एकामेकान दाखयल्ल्या आपलेपणाची कल्पना येवंन, तांचेंमदलें आपलेंपण आनीक दाट जाता.

– सं. मं.

कुतिन्यु, फोर्तुगादु द व्हेयग : (जल्म : ? मडगाव; मरण : १९६७)

क्रिस्ती धर्म फुडारी. ताणें आपलें धर्मीक शिक्षण राशोल सेमिनारींत घेतलें. १९४४ वर्सा तो पाद्री जालो. उपरांत १९६२ त तो बिशप जालो. ताणें बेळगांव वाठारांत कांय काळ बिशप म्हूण वावर केलो. ताका अपघाती मरण आयलें.

– सं. मं.

कुद्मल, रंगराया : (जल्म २९ जून १८६२ कुद्मल, कासरगोड (आदलो दक्षीण कन्नड जिल्लो) मरण : ३० जानेवारी १९२८ कोडियाल – मंगळूर)

कर्नाटक प्रदेशांतलो एक व्हड समाज सेवक. ताच्या बापायचें नांव देवप्पय्य आनी आवयचें नांव गौरी आसलें. सात भावंडां मदीं रंगराया व्हडलो चलो. ताचें प्राथमीक शिक्षण कासरगोड हांगा जालें. ताचें पिरायेच्या सोळा वर्सांचेर ताचो बापूय भायर पडलो आनी रंगारायाच्या वांट्याक वायट दीस आयले. फुडें कोडियाल (मंगळूर) हांगा मास्तरकी करून ताणें खाजगी रितीन मॅट्रीक्युलेशन आनी उप्रांत वकिलिची परिक्षा पास करून कोडियालाच्या डिस्ट्रीक्ट कोर्टांत वकिली सुरू केली. ल्हान पिरायेचेर ताचें गौरी कडेन लग्न जालें. तिणें ताका ताच्या सामाजीक कार्यांत भोव मदत केली.

कोडियालांत ब्रह्मो समाजाची शाखा स्थापन करपी रघुनाथय्य ताचो भावोजी आसलो. ताचेंवरवीं रंगराया ब्रह्मो समाजाच्या समाज बांधीलकिच्या तत्त्वांकडेन आकर्शीत जालो. हिंदुधर्मांत प्रचलीत आशिल्ल्यो रुढी, परंपरा, कुड्डी श्रद्धा, अस्पृश्यताय, बाल – विवाह आनी जाती – भेद अशा समाज घातकी परंपरां आड झगडूंक ताका हांगा प्रेरणा मेळली. ताणें तेच वांगडा विधवा विवाह, स्त्री स्वातंत्र्य, देवदासी पद्दत निर्मुलन अशा विशयांचेर वावर सुरू करून ब्रह्मो समाजाचो सक्रीय कार्यकर्तो म्हण वावरूंक लागलो.

समाज कार्या वांगडाच ताणें आपलें वकिली वेवसायांतय गरीब – दुबळ्यांखातीर मदत केली. तेखातीर ताका 'दुर्बळांचो वकील' ही लोक उपाधी मेळिल्ली. त्या काळांत सकल्या जातींतल्या लोकांचेर वयल्या जातींतल्या लोकांकडसून बरोच अन्याय जातालो. कोर्टांत वचून न्याय मागपा इतकी तांचेकडेन तांक, तशी हिम्मत नासली. अशा दुर्बळांचे खटले एक समाजकार्य म्हणून रंगराया कोर्टांत चलयतालो. अशाच एका खटल्यांत ताणें एके गुरवार दलीत बायलेक तिका फसोवन आनी उप्रांत उबंत उडोवपी सवर्ण मनशाकडसून तिका जीवनांश (alimony) घेवन दिलो. तेखातीर उच्चवर्णीय ताचेकडेन वायट नदरेन पळयताले आसले तरी समाजांत ताका नामनां मेळूंक लागली. इंग्लीश न्यायाधिशांनीय ताच्या ह्या

सामाजीक वकिलीखातीर शाबासकी दिल्या.

ह्याच काळांत ताच्या जिवितांत ताचे मुखार एक अशी घडणूक घडली, ते घडणुकेन ताच्या फुडाराची दिका ताका हाडून दिली. कोडियालाचे वेलेन्सियालागीं अस्पृश्यांखातीर एक शाळा आसली. पूण हे शाळेंत शिकोवपाखातीर कोण शिक्षक फुडें सर नासले. किन्निगोळी गांवचो रिबेल्यो नांवाच्या मनशान हे शाळेंत शिकोवप सुरू केलें. हे शाळेंत चौथी पास केल्ल्या बेंदूर बाबू नांवाच्या दलीत मनशाक कोर्टाचो बेलीफ म्हणून नेमणूक पत्र दिलें. हाका उच्च जातिंच्या वकिलांनी खर विरोध केलो. अशें नेमणूकपत्र दिवपी न्यायाधिशाची दुसरेकडेन बदली करपाक लायली. ह्या वेळार न्यायाधिशान दलीत मनशाक बेलिफाची नोकरी दिवपाक आपूण असमर्थ आसा अशें रंग रायाक आफोवन हाडून सांगलें आनी शोषीत वर्गाचे उदरगती खातीर चिंतन करपाक लायले. हे घडणुकेन रंगरायाक हे सामाजीक अन्यायी वेवस्थेआड झगडपाची आंतरीक प्रेरणा जावंन ताणें वकिलिचो वेवसाय बंद केलो. पुराय वेळ समाजकार्य करपाचो निश्चय करून फुडल्या वावराची आंखणी करपाक घेतलें. मनशां - मनशांमदीं भेद करपी सामाजीक वेवस्थेचो अभ्यास करून ताचेर उपाय काडपा खातीर आपूण आपलें जिवीत समर्पीत करतलो म्हणपाचें ताणें थारायलें.

दलितांच्या उद्धाराखातीर रंगरायान दोन तरेच्या कार्यावळी हातांत घेतल्यो. एकेवटेन समाज प्रबोधन आनी दुसरेवटेन दलितांचें स्वावलंबन. समाज परिवर्तन जावन दलितांक न्याय मेळोवन दिता आसतनाच दलितांखातीर शिक्षण आनी स्वयंरोजगार उपलब्ध करून, तांचेमदीं वयर सरपाची कुवत तसो आत्मविस्वास निर्माण करपाची मांडणी ताणें केली. तेखातीर ताणें दलितांखातीर शिक्षण संस्था आनी वसतीघरां उभारपाचो निर्धार केलो. ताच्या फुडारपणाखाला मंगळुरांत उवीचिलिंबी प्राथमीक शाळा, कंकनाडी प्राथमीक शाळा, बोळुरू प्राथमीक शाळा, शेडिगुड्डे प्राथमीक शाळा, शेडिगुड्डे उद्योगीक प्रशिक्षण शाळा, महिला वसती निलय अशो दलितांच्या उद्धाराक हातभार लावपी संस्था घडयल्यो. फुडाराक अत्तावर, दड्डलका डु, उल्लाळ, मुलवी आनी उडुपी लागीं बन्नंजे, नेजारू गांवांत दलिताखातीर माध्यमीक शाळा सुरू केल्यो. शाळांनी शिकप्यांखातीर ताणें दनपार - जेवणाची सोय केल्ली. तशेंच नचुकता, नेमान शाळेंत योवपी भुरग्यांक तो २ ते ६ पयशे बक्षीस दितालो. ह्या शाळांनी चौथी वयर पास जाल्ल्या भुरग्यांक तो अध्यापन प्रशिक्षक संस्थांनी (टिचर ट्रेनिंग स्कूल) धाडून प्रशिक्षीत करतालो आनी मागीर तांकां आपल्या शिक्षण संस्थांनी शिकोवपाचें काम करपाक प्रोत्साहन दितालो.

त्या काळांत, दक्षीण कन्नड जिल्ल्यांतली सकयल्या जातींची, परिस्थिती बिकट आसली. हे लोक वयल्या वर्गांतल्या जमिनदाराकडेन कामाक आशिल्ल्यान, पुरायपणान तांचेर अवलंबून उरताले आनी ते लोक हाचोच फायदो घेवन तांचें आर्थीक तशेंच सामाजीक शोशण करताले. ह्या लोकांक स्वावलंबी करून स्वाभिमानान जगचेखातीर तांकां तांच्या स्वताच्या पांयार उबे करपाची गरज आसली. तेखातीर तांच्या आंगांतल्या गुणांचेर आधारीत तांकां वेवसाय दिवची रंगरायान तयारी केली. ताणें 'घर उद्योग संस्था' सुरू करून थंय मार्ग काडलो. ताणें सरकाराकडसून मेळिल्ली, स्वताची आनी दानपत्रान प्राप्त जाल्ली जमीन घरां बांदपाक, शेती करपाक आनी

तांचे उदरगतीच्या हेर कामाखातीर वापरपाक ताणें घेतली. तशेंच ह्या लोकांक आध्यात्मीक विचारांची वळख जावंच्या उद्देशान ताणें कोडियाळचे कापिकाड वसतींत 'स्टार हॉल' नांवाचें प्रार्थना मंदीर बांदलें. थंय भजन, पुजन, प्रार्थना सारख्यो आध्यात्मीक कार्यावळी जावंक लागल्यो.

शोषीत लोकांक तांचो जगपाचो हक्क स्वालंबनान प्राप्त जातलो ह्या ध्येयान तो वावुरलो. तेखातीर तो तन – मन – धनान कार्य करतालो. शाळा, वसतीघरां आनी घर – उद्योग, हस्तकलाचें कार्य मुखार व्हरपाक ताणें खूप कश्ट घेतलें. दारादारान वचून गरजेच्यो वस्तू पुंजायल्यो. तें करताना लोकांचे टिकेक तोंड दिलें. ताच्या सारस्वत समाजान ताचेर सामाजीक बहिश्कार घालो. लोक ताची आनी ताच्या भुरग्यां – बाळांची निंदा, अपमान करताले. पूण तो खचलोना ताणें ह्या वावराखातीर 'दि डिप्रेस्सड क्लासेस मिशन' हे संस्थेच्या नांवाखाला आपलो वावर चालूच दवरलो. ताच्या वावराची माहिति पयस – पयस पावून रवींद्रनाथ टागोर, दीनबंधु, सि. एपू. आँड्रूस, डॉ ॲनीबेसंट, महात्मा गांधी, गोपाळ कृष्ण गोखले, डॉ. कार्नाड ह्यां सारखिल्या मानादीक लोकांनी ताच्या अस्पृश्यता निर्मुलन वावराची प्रत्यक्षांत पळोवणी करून ताची तोखणाय केली.

तांचें हें कार्य यदें व्हड जाल्लें की ताच्या मरणा उप्रांत, १९३४ त जेन्ना महात्मा गांधी, एके कार्यावळी खातीर कोडियालाक आयिल्लेकडेन, रंगरायाचें कार्य पळोवन प्रभावीत जालो. आपल्या जाहीर उलोवपांत ताणें तेन्ना रंगराय हो अस्पृश्यता निर्मुलन विचारांत आपलो गुरू आसा अशे जाहीर केलें. १९२२ त, रंगरायान 'दि डिप्रेस्सड क्लासीस मिशन' हे आपले संस्था 'सर्वंटस् ऑफ इंडिया सोसायटी' हे राश्ट्रीय संस्थेत विलीन केली.

जिविताच्या अंतीम पर्वात रंगराय हाणें सर्वत्याग करून संन्यास घेतलो. १९२४ त स्वामी श्रद्धानंद हाचेकडल्यान संन्यास घेवंचो अशें चितिल्लें. पूण स्वामीचें अकस्मात निधन जाल्ल्यान ताचो शिश्य स्वामी सुविचारनंद हाचेकडसून संन्यास स्विकारलो. ह्या संन्यासविधीवेळार, पंडित, धर्म देवविद्या वाचस्पती हाणें रंगरायाक स्वामी ईश्वरानंद हें नांव दिलें. तेवेळार ताका ब्रिटीश सरकारान दिल्लो 'राव साहेब' हो किताब ताणें होमांत घालून जिवितांत वैराग्य पत्करलें.

जरी ताणें लौकीक अर्थान वैराग्य पत्करिलें तरी गरीब – दुबळ्यांच्या उद्धाराचें ध्येय सोडूंक नासलें. काळजाची पिडा जावंन आपूण चड दीस वांचचोना हें कळटकीर ताणें आपल्या मरणाउप्रांत आपलें मडें दलितांमदली एक कनिश्ट अशिल्ली जाडमाली जातिच्या लोकांकडसून मसुंडेंत व्हरचें अशें आपल्या इत्सापत्रांत बरोवन दवरिल्लें. जेन्ना ताचें निधन जालें तेन्ना सवर्णांचो विरोध आसूनय ताचें इत्सेप्रमाण ताच्या मड्याक जाड माली आनी हेर दलीत लोकांनी खांद दिवन, भजन, प्रार्थना करून मिरवणुकीन ब्रह्मोसमाजाचे स्मशान भुयेंत व्हरून निमणें संस्कार केले.

– डॉ. जयवंत नायक

कुन्य, त्रिशतांव ब्रागांझ : (जल्म : २ एप्रील १८९१, चांदर, साश्टी, मरण : २६ सप्टेंबर १९५८ मुंबय, महाराष्ट्र)

गोंयचो म्हान सुटके झुजारी ताचें पुराय नांव

46

आन्तोनिओ सेबाश्तयांव दुश रेमेदिडश फ्रान्शिश्कु तोमेत्रिस्तांव द ब्रागांझ, द कुन्य. तो चांदर गांवांत जल्मलो तरी ताचें भुरगेंपण कांसावले वाठारांत गेलें. पणजे ताणें पोर्तुगेज सेकंडरी स्कुलांत शिक्षण घेतलें. पूण, थंयची शिक्षण पद्धत ताका मानवली ना. देखून तो पाँडिचरीक गेलो आनी थंयच्या फ्रेंच कॉलेजींत ताणें बाकोलोरेआ (बी. ए.) मेरेन शिक्षण घेतलें. उपरांत पारिसाक वचून सॉर्बोन विद्यापिठांत इलेक्ट्रिकल इंजिनियरिंगची पदवी मेळयली आनी तो थंयच काम करूंक लागलो. तेन्ना रशियेंत राजकी चळवळ चलताली आनी भारतांत महात्मा गांधीच्या फुडारपणाखाल नवजागृती चलताली. ताचेर तिचो परिणाम जावन आपल्या हक्कांपासून झगडपाची ताका स्फूर्त मेळ्ळी. फ्रेंच खबरांपत्रांनी ताणें स्वातंत्र्याविशीं लेख बरोवंक सुरू केले. 'युमानिते' ह्या फ्रेंच खबरापत्राचेर नेमान बरपां करून ताणें जलियनवाला बाग घडणुकेंतल्यान आनी हेर राजकारणांतल्यान ब्रिटिशांचे जुलमी राजसत्तेची फ्रेंच लोकांक वळख करून दिली. संवसारीक नामना मेळिल्ल्या रोमां रोलां हाणे थापणूक केल्ल्या वसाहतवादाच्या आड वावुरपी 'अँन्टी इंपिरियलिस्ट लीग' हे संस्थेचो तो सभासद जालो.

फ्रांस देशांत १४ वर्सां रावल्या उपरांत १९२६ वर्सा तो भारतांत आयलो. १९२८ वर्सां ताणें पीटर आल्वारीस आनी आत्माराम मयेंकार हांच्या पालवान भारतीय काँग्रेसीचो फांटो म्हूण 'गोवा काँग्रेस कमिटी' हे संस्थेची थापणूक केली. तिचें १९३६ त मुंबय स्थलांतर जालें. ताणें आपले बरपावळीवरवीं साम्राज्यवाद तशेंच लोकांक लिपोवन चलयल्ली गुलामगिरी ह्या विशयांचेर उजवाड घालो. आसामांतच्या तयार करपाच्या मळ्यांनी गोंयचे गरीब कुणबी लोकांक व्हरून तांकां गुलामांसारकी वागणूक मेळटाली. तांच्या आड ताणें १९२९ वर्सासावन आवाज काडपाक सुरवात केली. अशा वेळार तेन्नाचे भरतीय काँग्रेसीचे सरचिटणीस जवाहरलाल नेहरू हाचेवरवीं यत्न करून १९४० वर्सा गोंयच्या कुणबी लोकांक गुलामगिरींतल्यान सोडोवन हाडपाक ताका यश मेळ्ळें. १९४१ वर्सा साश्ट आनी मुरगांव तालुक्यांत पावसाच्या हुंवारांत पिडीत जाल्ल्या लोकांक मदत करपाक आपदग्रस्त निधी एकठांय करपांत ताणें वांटो घेतिल्लो. १९३९ ते १९४६ ह्या काळांत जायरातीवरवीं गोंयच्या राजकी घडणुकांविशीं लेख बरोवन जागृताय हाडली. 'गोंयकारांचें अराष्ट्रीयकरण' (Denationalisation of Goans) हें पुस्तक बरोवन ताणें पोर्तुगेजांकडल्यान पद्धशीर गोंयच्या लोकांक मानसीक गुलाम करपाचे यत्न कशे चलतात, हाचें पुराय चित्रण केलें.

१९४५ वर्सा ताणें 'गोअन युथ लीग' हे संस्थेची मुंबय थापणूक केली. ३० जून १९४६ दिसा ताणें मडगांवांत सभा बंदिचो कायदो मोडून उलोवप केलें म्हणून मडगांव शारांत ताका अटक जाली. ताचें उपरांत १२ जुलय १९४६ दिसा ताका परतो धरलो आनी मिलिटरी कोर्टान आठ वर्सा काळ्या उदकाची ख्यास्त फर्मायली. १९५२ वर्सा लिश्बोआचे बंदखणिंतल्यान ताची सुटका जाली. थंयच्यान गोंयांत

येवपाक ताका मनाय आशिल्ली देखून तो फ्रांसाक गेलो आनी उपरांत ४ सप्टेंबर १९५३ त मुंबय आयलो. मुंबय ताणें गोंयच्या सगळ्या राजकी पक्षांची 'गोंय कृती समिती' (Goa Action Committee) ची थापणूक केली. हे समितीवरवीं ताणें दादरा आनी नगर हवेलीच्या सुटके झुजाखातीर तेचपरी १९५४ आनी १९५५ वर्सा जाल्ल्या सत्याग्रह चळवळीचो वावर हातांत घेतलो. 'आझाद गोंय' आनी 'फ्री गोवा' अशीं नेमाळीं उजवाडाक हाडून ताणें अखेरमेरेन गोंयचे सुटकेखातीर वावर केलो. २६ सप्टेंबर १९५८ ह्या दिसा ताका मुंबय मरण आयलें. ताचे कुडीर निमाणे संस्कार करूक मुंबयच्या कॅथलीक प्राद्रींनी विरोध केलो म्हणून चर्च ऑफ स्कॉटलंडचे शिवडीचे सिमितरींत २८ सप्टेंबर १९५८ दिसा निमाणे संस्कार जाले. मरणा उपरांत ताच्या शांततायेच्या वावराखातीर १९५९ वर्सा स्टॉकहोम हांगाच्या संवसारीक शांतताय काउन्सीलवरवीं (World peace council) ताका भांगरापदक फाव जालें. १९६१ वर्सा ताची सगळी बरपावळ एकठांय करून ताच्या वांगड्यांनी Goa's freedom struggle नांवाचें पुस्तक मुंबय उजवाडाक हाडलें. तांच्या उगडासाखातीर टी. बी. कुन्य मेमोरियल ट्रस्टाच्या पालवान ताच्या कुटुंबियांनी पणजे शारांत तांच्या नांवान सभाघर बांदला. १८ जून १९८४ ह्या दिसा गोंय सरकाराकडल्यान ताच्या सुटके झुजांतल्या वावराचो मरणोत्तर भोवमान जालो. २६ सप्टेंबर १९८६ दिसा गोंय सरकारान, चर्च ऑफ स्कॉटलंड (Church of Scotland) मसंड, शिवडी – मुंबय हांगा आशिल्ल्यो ताच्यो अस्थी गोंयांत हाडून पणजे शारांतल्या आझाद मैदानाचेर उबी आशिल्ले पुर्तुगीज कालीन बांदवळींत दवरल्यो आनी थंय टी. बी. कुन्य यादस्तीक उबारलें. गोंय सरकाराचे वतीन दर वर्सा २६ सप्टेंबराक गोंयचो मुखेल मंत्री, हेर मंत्री, आमदार, स्वातंत्र्यसैनीक आनी अधिकारी ह्या यादस्तीकाचेर फुलां ओंपून ताचें स्मरण करतात.

– **सं. मं.**

कुन्य रिव्हार, ज्योकीं एलिऑदोरु द :

(जल्म : २३ जून १८००, आर्शयोलॉस, पोर्तुगेज : मरण : २० नोव्हेंबर १८७९, एव्हॉर)

कोंकणी आनी मराठी भाशांचो पोर्तुगेज विद्वान, इतिहासकार आनी संपादक. ताचो बापूय आंतोनियु फ्रांसिश्कु रिव्हार हो इटालियन, जाल्यार आवय मारिया इझाबेल काश्तेलु ब्रांकु ही स्पॅनिश आसली.

१९२४ वर्सा कुन्य रिव्हार, कोईंब्रा हांगाच्या विद्यापिठांत शिक्षणाखातीर गेलो, आनी १८३९ वर्सा ताणें त्या विद्यापिठांत वैजकी शास्त्राचो अभ्यास पुराय केलो.

वैजकी वेवसाय करचे बदला कुन्य रिव्हारान एव्हॉरा हांगा तत्व-गिन्यानाचो शिक्षक म्हूण काम करपाक सुरवात केली. आनी त्याच एव्हॉरच्या ग्रंथालयांत ग्रंथपाल म्हूण काम केलें. तशेंच,

५

ग्रंथालयाची पद्धतशीर रचणूक करून ८ हजार ग्रंथाखातीर नवी इमारत बांदली. पोर्तुगालांत जंय – थंय आशिल्ल्या धर्म मठांतल्यान सुमार १० हजार म्हत्वाचे इतिहासीक ग्रंथ एकठांय केले.

१८५५ वर्सा, कुन्य रिव्हार, गोंयचो राज्यपाल व्हिशकाँदि दू तोर्रिश नॉव्हश हाचो मुखेल सचीव म्हण आसलो. आपले कारकिर्दींत ताणें राज्यकारभार, शिक्षण, उद्येगधंदे, अर्थकारण ह्या मळांचेर बरोच वावर आनी सुदारणां केल्यात.

कुन्य रिव्हार, ब्राझीलच्या विज्ञान अकादमीचो तशेंच हेर विज्ञान आनी साहित्य संस्थाचो वांगडी आसलो.

१८५८ त जुवांव द बारुर्श आनी दियोगु दु कोश्तु ह्या इतिहासकारांच्या ग्रंथांतलें संशोधन फुडें व्हरपाची जापसालदारकी पोर्तुगेज सरकारान कुन्य रिवाराचेर सोंपयली. ताणें दीव ते कन्याकुमारी आनी मलबार ते कोरोमंडल हांगाची भोंवडी करून ज्या सुवार्तिनी पोर्तुगेजांचें अस्तित्व आसलें तेविशीं अभ्यास केलो. गोंयच्या पुराभिलेख संग्रहालयांत आशिल्ल्या मोलादीक कागदपत्रांचो अभ्यास करून तीं 'बोलेती ओफिसियाल', 'क्रोनिश्त द् तिसुआरी' आनी हेर नेमाळ्यांनी उजवाडायलीं.

कोंकणी भाशेचो उगम, विकास आनी तिचे उदरगतिंतल्यो आडखळी हांची खबर योग्य ते पुरावे दिवन ताणें सादर केल्या. १८ व्या शेकड्यापसून कोंकणी साहित्याचे उदरगतींत खंड पडिल्लो आनी कोंकणी भाशेची दशा वायट जाल्ली. कुन्य रिव्हारान आपल्या विचारांनी कोंकणीच्या पुनरुत्थानाची बुन्याद घाली.

कुन्य रिव्हारान 'पानोरामा', 'आर्कोव्ह उनिव्हेर्सील लिश्बोनॅन्सि ह्या सारक्या नेमाळ्यांनी संशोधनपर लेख बरयले. १७ व्या शतमानांत एका पोर्तुगेज धर्मप्रचारकान बरयल्ल्या 'ग्रामातिक द् लिंग्व कोंकानी नु दियाले तु दु नॉर्ति' (उत्तरेकडले कोंकणी बोलीचें व्याकरण) हें पुस्तक उजवाडाक हाडलें. १९५७ वर्सा, फादर टॉमस स्टीफन्स (१५४९–१६१९) हाच्या आर्ति द लिंग्व कानारी (कोंकणी भाशेची कला १६४०) ह्या पोर्तुगेजींत बरयल्ल्या, कोंकणी व्याकरणाची नवीन आवृत्ती उजवाडायली. तशेंच, फ्रेंच भोंवडेकार पिरार द् लाव्हाल, जो गोयां आयिल्लो, ताचो प्रवास ग्रंथ पोर्तुगेजींत अणकारुन टिपां सयत उजवाडाक हाडलो (दोन खंड – १८५८, १८६२). एका इटालियन धर्मप्रचारान बरयल्लें, 'ग्रामातिक द् लिंग्व कोंकानी (कोंकणी भाशेचें व्याकरण, १८५९) एका इटालियन धर्मप्रचारान बरयल्लो 'दिसियोनारियु पोर्तुगेज – कोंकानी (पोर्तुगेज – कोंकणी शब्दकोश, १८६८) हे ग्रंथ उजवाडायले. १८५७ वर्सा गोंया उजवाडाक आयिल्लो ताचो ग्रंथ 'अँसारियु इश्तोरिकु द् लिंग्व कोंकानी' (कोंकणी भाशेचेर इतिहासीक निबंध) हो कोंकणी भाशेच्या इतिहासांतलो एक महत्वाचो ग्रंथ.

ह्या ग्रंथांनीं गोंयच्या पुराभिलेख संग्रहांतल्या कोंकणी – मराठी ग्रंथांचो अभ्यास करून तांची वळेरी दिल्या. ते वेळेरेंत पाद्री टॉमस स्टीफन्स, पाद्री दियोगु रिबेंस, पाद्री आन्तोनियु द् सालदान्य, पाद्री मिंगेल द आल्मेद, पाद्री मानुएल बान्य, पाद्री गाश्पार सां. मिंगेल हांचो आस्पाव आसा. कोंकणीची उदरगत करपापासत ह्याच ग्रंथांनीं कुन्य रिव्हारान गोंयकारांक आपले आवय भाशेचो अभिमान बाळगात अशी स्फूर्त दिवपी उतरां दिल्या.

शिक्षणक्रमांत कोंकणी भाशेच्या अभ्यासाक सुवात आसची, देखून ताणें 'आदव्हेर्तेसियश आडस

प्रोफेसोरिश प्रिमारियुश सोब्रिउ एंसीनु, द लिंग्व कोंकानी' (कोंकणी भास शिकोवपाविशी मुळाव्या शिक्षकांक सुचोवणी) हे पुस्तक बरयलें. ह्या पुस्तकांत ताणें, कोंकणी ही गोंयच्या भुरग्यांची मांयभास आशिल्ल्यान तिचो मुळाव्या शिक्षणांत आस्पाव जावंक जाय, असो विचार मांडला. कुन्य रिव्हारान केल्ल्यो सुचोवण्यो तोर्रिश नॉव्हश गोव्हेर्नादोरान आपल्या १८५९ वर्सा काडिल्ल्या शिक्षणविर्शीच्या जाहीर नाम्यांत मानून घेतल्यो. पूण १८६९ वर्सा गोव्हेर्नादोर पोस्तान हाणें शिक्षणक्रमांतल्यान कोंकणी सामकी काडून उडयल्ल्यान कुन्य रिव्हाराच्या सुचोवण्यांचो कांयच उपेग जालो ना. १८७० वर्सा, कुन्य रिवारान आपल्या हुद्याचो राजिनामो दिलो. तरी तो गोयांत १८७७ मेरेन, कांय काळ उरलो. कांय काळ लिश्बोआक रावल्या उपरांत तो एव्होरा हांगा वचून रावलो.

– सं. मं.

कुपन : मोडच्या पयशां (नाणीं) सुवातेर वापरांत आयिल्ली देव-घेविची खाजगी पर्यायी वेवस्था. मोडच्या पयशांची, खुपदां, वेव्हारांत टंचाय निर्माण जाता. ही टंचाय केन्ना सरकाराकडल्यान फाव त्या प्रमाणांत मोडचे पयशे उपलब्ध करून दिना तेन्ना जाता, तर केन्ना मोडच्या पयशांच्या धातुचें मोल, पयशांच्या खरेंदी मुल्यापरस चड जाता, तेन्ना जाता. असो मोलामदीं फरक उरत तर कांय लोक मोडचे पयशे वितळून ते धातुच्या रुपांत चड किंमतीक विकता. तेखातीर आतां नाण्यांच्या धातुचें मोल ताच्या खरेदी मोलापरस उणें दवरून नाणीं करतात.

जेन्ना मोडच्या पयशांची टंचाय निर्माण जाता, तेन्ना विक्री – खरेदिच्या वेव्हारांत अडचण येता. नोट वा व्हडलें नाणे दिवंन खरेदी जाता तेन्ना उरिल्ले मोडचे पयशे गिरायकाक दिवपाक पसरकाराकडेन उपलब्ध नासता. अशा वेळार उरिल्ल्या पयशांची दुसरी कसली वस्त खरेदी करपाचें गिरायकाक सुचोवप जाता. पूण ही दुसरी वस्त खरेदी करपाची सुचोवणी सगळ्यांच गिरायकांक दर फावटी मान्य नासता. अशा वेळार उरिल्ल्या मोडच्या पयशांचें मोल छापिल्लो आनी पसऱ्याचें नांव आनी पसरकाराची सय आशिल्लो, वाटकुळो वा चवकोनी कागदाचो कुडको वेव्हारांत आयलो. कागदाच्या कुडक्याच्या रुपांत आशिल्लें हें कुपन आतां बऱ्याच पसरकारांकडल्यान वापरप जाता.

ह्यां कुपनांक तशे वैधनीक मान्यताय नासली, तरी पसरकार आनी गिरायक हांच्या मदल्या विस्वासाचें तांकां अधिष्टान प्राप्त जाल्ल्याकारणान, तीं मोडच्या पयशांची उणीव भरून काडटात. अशीं कुपनां फकत कुपनांचेर नांव आशिल्ल्या पसऱ्यारच स्विकारतात. हेर कडेन तांकां स्विकृती नासता.

– सं. मं.

कुमटा (कुमण, कुमट) : कर्नाटकाच्या उत्तर कन्नड जिल्ल्यांतलो एक तालको अरबी समुद्राचे करावळी प्रदेशांतल्या ह्या तालुक्याचे उत्तरेक 'गंगावळी' न्हंय, दक्षिणेक 'बडगणी' न्हंय, पुर्वेक सह्याद्री पर्वत आनी पश्चिमेक अरबी समुद्र आसा. ह्या तालुक्याची सुमार २५,००० लोकसंख्या आसून, अंदाजे आठेक हजार कोंकणी लोक आसात. हांगाच्या नामनेच्या पुरातन 'कुंभेश्वर' देवस्थानाच्या नांवावयल्यान ह्या प्रदेशाक कुमटा हें नांव पडलां आसूं

येता. कुंभेश्वर देवळाक 'कुंभमठ' अशेंय एक नांव आसा. कुंभमठावयल्यान कुंभमठ – कुमठ – कुमठा – कुमर अशी नावाची उत्पत्ती जायत सद्याक कुमटा हें नांव रूढ जालां.

स्कंध पुराणांतल्या सह्याद्री खंडांत ८७–८८ च्या अध्यायांनी, 'कुंभेश्वर महात्मे' ही कथा येता. हे कथेप्रमाण, ह्या प्रदेशांतल्या कुंभासू नांवाच्या राजान 'कटज' पर्वताचेर बसून, खर तप करून, ब्रह्मदेवाक प्रसन्न करून घेतलो. ब्रह्मदेवान दिल्ल्या वरांक लागून तो मदांच जालो. आनी देवांक हारोवन सर्गाचो अधीपती जावपाचो यत्न करुंक लागलो. रुशी – मुनींक सतावंक लागलो. सगळे देव एकठांय जावन 'उद्धालक' रुशीकडेन मार्गदर्शन घेवंक गेले. 'उद्धालक' रुशीन तांकां तागेलें सह्याद्री पर्वतार आशिल्लें लींग सोदून हाडपाक सांगलें. ताचें सांगणेप्रमाण देवांनी तें लींग सोदून हाडलें आनी पुजेक लायलें. तीन वर्सां उप्रांत लिंगातल्यान देवी प्रगट जावंन तिणे कुंभारसुराक मारलो. उप्रांत ती देवी पर्थून लिंगांत वचून बसली. कुंभासुराचो वध केलो म्हणून ह्या लिंगाक 'कुंभेश्वर' अशें नांव पडलें.

ह्या प्रदेशाचें मुखेल शार कुमटा ह्या नांवान प्रसिद्ध आसून ताका इतिहासीक म्हत्त्व आसा. हें शार दुसऱ्या आनी तिसऱ्या शतमानांत शातवाहनाल्या अधिकाराखाला आसलें. स ते आठ शतमानांत बदामीचे चालुक्य, आठ ते णव शतमानांत राष्ट्रकूट आनी धा ते तेरा शतमानांत हो वाठार देवगिरीच्या यादवांच्या अधीपत्याखाला आसलो. उप्रांत चंदावराचे कदंबांनी हांगा राज्य केलें. १६०८ सालांत हांगा साळुव घराण्याची सत्ता चलताली. गेरसोप्येची राणी चेन्न भैरदेवी हिचो मंत्री, चौडप्पा शेट्टी, कुमटाचो जांवय आसलो. सागरांतले केळदीचे वेंकटप्प नायक हाच्या अधिकाराखाला १७६३ मेरेन कुमटा उरलें. उप्रांत हैदर अली आनी टिप्पु सुलतानाचे सत्तेखाला आयिल्ल्या ह्या वाठाराची वायट परिस्थिती जाली.

ब्रिटिशांचे कारकिर्दींत हो प्रदेश मद्रास प्रांताचो वांटो जावन आशिल्ल्यान मद्रास प्रेजीडेन्सीच्या गव्हर्नराच्या अधिकाराखाला हांगचो कारभार चलतालो. १८६२ सालांत कन्नड प्रदेशाचे दक्षीण आनी उत्तर कन्नड अशे दोन विभाग जाले आनी कुमटा उत्तर कन्नड विभागांतल्या कारवार जिल्ल्यांत आयलो. १५–१६ व्या शतमानांत कुमटा बंदरांतल्यान मिरसांगो, सुपारी, कापूस, तांदूळ हो माल अरबस्तान, चीन, ईजिप्त, सिलोन आदी देशांनी धाडटाले. ते वेळार फ्रेंच, जर्मन, डच हांगच्या वेपाऱ्यांचो कुमटाकडेन संपर्क आसलो. ब्रिटिशांच्या काळांत हांगच्यान मुंबय मार्गान कापसाची निर्यात लंडनाक जाताली. लंडन शारांतल्या एका रस्त्याक ''कुमटा कॉटन स्ट्रीट'' हें नांव लेगीत पडिल्लें. इतकी त्या वेळार कुमटाची परदेशांत ख्याती आसली.

कुमटा शार, समुद्रादेगेकडसून तीन किलोमिटराचेर आसून ताच्या आशी कुशीक न्हंयो आसात. हेर कोंकण वाठारांत मेळपी आंबे, पणस, काजू, नाल्ल, सुपारी, भात, केळीं हीं हांगची मुखेल पिकावळ आसा. दर्यादेग आनी न्हंयो आशिल्ल्यान हांगा नुस्तेमारी व्हड प्रमाणांत चलता. हांगचे चंदनी लाकूड – कोरिवकाम जगप्रसिद्ध आसून हांगच्या गुडिगारानी (कोरिवकाम कलाकार) तयार केल्ल्या कालाकृतींक देशांत तशो परदेशांत व्हड मागणी आसा.

कुमटांतल्या देवा कामदी ''श्री शांतेरी कामाक्षी'', ''श्री म्हाळसा'', ''श्री काबूर कामाक्षी'', ''श्री शांतिका परमेश्वरी'' (ग्रामदेवता बाड), 'हेड बंदर' आनी भुकैलास म्हणून नामना जोडिल्ले नामनेचें

गोकर्ण क्षेत्र. हांगां रावणान हाडिल्लें. शिवलींग आसून ताका महाबळेश्वर म्हणटात. तशेंच हांगा एक व्हड मशीद, कॅथोलीक चर्च आनी प्रोटेस्टंट ख्रिश्चनांची चर्च आसात. हांगची गिब हायस्कूल ही १९०८ त स्थापन जाल्ली. शिक्षणीक संस्था, उत्तर कन्नड जिल्ल्यांतली एक पुरातन संस्था आसा. तिच्या भांगरा उत्सवी सुवाळ्याक भारताचे पयले राष्ट्रपती डॉ. राजेंद्र प्रसाद हाणें हजेरी लावन, ते वेळार हे संस्थेच्या सभा भवनाचें उक्तावण केल्लें. १९४५ त सुरू जाल्ली 'केनरा कॉलेज', ही आनीक एक हांगची उच्च शिक्षण दिवपी संस्था, आनी उत्तर कन्नड जिल्ल्यांतली पयली कॉलेज आसून, हांगा कला, विज्ञान, वाणिज्य, शिक्षण–शास्त्र, तांत्रीक – शिक्षण, वेवस्थापन शास्त्र शिकयतात.

हांगा रोटरी क्लबावतीन रगत – पेढी, नाद श्री कलाकेंद्र (संगीत–शाळा) आनी लायन्स क्लबावतीन दोळ्यांचे हॉस्पीटल चलता. हांगची एक प्रसिद्ध व्यक्ती आनी लोकप्रीय समाज – कार्यकर्तो बि. एं. पै हाचो जवाहरलाल नेहरू डॉ. राजेंद्र प्रसाद सारखिल्ल्या लोकांकडेन लागिचो संबंध आयिल्लो.

– सं. मं.

कुमसार (Confession) : किरिस्तांव धर्मांतलो कबुली – जबाब (Confession) दिवपाचो संस्कार. हें उतर Confessar ह्या पुर्तुगीज उतरा वयल्यान आयला. आठ वर्सांचेर भुरग्याक पयलो कोमुन्यांव दिवचे पयलीं हो संस्कार करता. कुमसार म्हणजे गुन्यावाची (पातकाची) देवामुखार कबुली दिवंन भोगशिणी (प्रायश्चीत) घेवप. कुमसार जावपाखातीर इगर्जेंत खाशेली वेवस्था केल्ली आसता. थंय एक 'कुमसोतोर' (Confession box) आसता. कुमसार जातल्या मनशान हे पेटयेंत वचून आपणाकडेन कळत – नकळत घडिल्ल्या वायट कर्तुपांची ल्हव आवाजान कबुली दिवंची आसता. तेन्नाच पेटयेच्या दुसरेवटेन पेटयेक आशिल्ल्या ल्हान बुराकाक पाद्री कान दिवंन आसता. कबुली दितल्याचीं उतरां पाद्रीच्या कानार पडटात. पूण ताचें तोंड पाद्रीक दिसचेंना अशी थंयची मांडावळ आसता.



कुमसार करतल्याचे वतीन पाद्री (देवदूत) देवाकडेन ताचेखातीर भोगशिणी मागता आनी तो पातकांतल्यान मुक्त जावंचो अशी प्रार्थना करता. कुमसार जाल्ल्या मनशान अशीं वायट कर्मां आपूण हें फुडें करचोना असो निश्चय करचो अशी ताचेकडल्यान अपेक्षा आसता. कुमसार करपाच्या वेळार पाद्रीच्या कानार पडिल्लीं उतरां (कबुली) पाद्रीन आपणाकडेनच एक गूट (Secreate) म्हणून दवरचो आनी ताची कोणाकडेन वाच्याता करची न्हय असो नेम आसा.

आठव्या वर्सांचेर जाल्लो कुमसाराचो संस्कार हो एक रिवाज आसलो, तरी उप्रांत मनशाक जेन्ना जेन्ना

कबुली – जबाब दिवपाचो आसत तेन्ना तेन्ना ताणें कुमसार – पेटयेंत वचून कबुली दिवं येता. मर्णापयलीं आपणेन केल्ल्या सगळ्या पातकांची कबुली दिवन भोगशिणी मागली तर मर्णाउप्रांत सर्गप्राप्ती (मोक्ष) जाता असो समज आसा.

– सं. मं.

कुमारधारा न्हंय : कर्नाटकांतली एक मुखेल न्हंय. हे न्हंयचो उगम कुमार पर्वतांत जावन सकयल देवून ती उप्पीननगडी हांगा नेत्रावती न्हंय मेळून उप्रांत अरबी समुद्राक वचून मेळटा. हे न्हंयचे देगेर कर्नाटकांतलें व्हड पवित्र धार्मीक स्थळ कुक्के सुब्रह्मण्य आसा.

तारकासूर राकेसाचो वध केल्या उप्रांत कार्तीकेयान हे न्हंयच्या उदकांत आपलो भालो धुल्लो अशी आख्यायिका आसा. त्रेतायुगांत, एकवीस वेळा निक्षत्रीय धर्तरी करतकीर, परशुरामान आपल्या माथ्यावयलीं पातकां हे न्हंयच्या उदकांत धुवून काडलीं असो उल्लेख आसा. द्वापार युगांत सांब हाणें आपणाक मेळिल्ल्या म्हारोगाच्या शापांतल्यान आपल्या कुडीक मुक्ती मेळची म्हणून हे न्हंयचो चिखल आपल्या आंगाक सारून, ताणें तिच्या उदकांत न्हाण घेतिल्लें असो संदर्भ मेळटा.

कुमारधारा आनी नेत्रावती हांचो उप्पीननगडी हांगा जाल्लो संगम हें भाविकांचें पवित्र तिर्थ जाला आनी कुक्के सुब्रह्मण्य तिर्थार वचचें पयलीं हांगां न्हाण घेवप हो भाविकांचो नेम जाला. ह्या संगमार न्हाण घेतल्यार मनशाचे कुडिच्यो सगळ्यो व्याधी पयसावतात असो भाविकांचो भावार्थ आसा.

– सं. मं.

कुरकूट (कोळवो) : आदल्यां घरांनी, देवळांनी आनी हेर बांदकामांनी दिसपी घराचे वण्टीक दार नाशिल्लो खण. आदल्या काळांत आमचे सारक्यो आलमारी वा शोकेसी नासताल्यो. दिसपट्टे गरजेच्यो वस्ती, सुरक्षीत सुवातेर दवरपाची सोय म्हणून अशें जायतीं कुरकुटां घराचे वण्टी – वण्टीर

कोरांतताले. हेर गरजेच्या वस्ती वांगडाच जायते फावट पणटी वा दिवो जळपाक वाऱ्यापासून सुरक्षीत सुवात म्हणून कुरकुटाचो उपेग जातालो. कुरकुटाक कांयकडेन कोळवो अशेंय उतर वापरिल्लें मेळटा. हीं कुरकुटां ते ते वेळवयले वास्तू बांदावळिचे पद्दतिप्रमाण चवकोनी, कमानदार (घुमटेचो आकार) वा वाटकुळीं आसतालीं आनी तीं सुमार ६ ते १२ इंच रुंदायेचीं सुमार ८ ते १२ इंच उंचायेचीं आनी सुमार ६ ते ७ इंच खोलायेचीं आसतालीं. व्हड आकाराच्या घरां–

देवळां वा हेर बांदावळिंनी गरजेप्रमाण हाचेयपरस व्हड आकाराचीं कुरकुटां आसतालीं. आयच्या आधुनीक बांदावळींत कुरकुटांत सुवात नासली तरी पोरन्या घरांनी तीं आजय पळोवपाक मेळटात

पुरक नोंद : कंत्रेल

– सं. मं.

कुरपणो : फुलां दवरपाचे आयदन. देवपुजेक लागता तीं फुलां फुलझाडां वयल्यान काडून कुरपण्यांतल्यान घरांत हाडपाची चाल आसा. निखट्यां हातांनी जाय तितकी फुलां हाडपाक मेळना. तेभायर हातांत फुलां चिड्डपाचो, पिसुडपाचो भंय आसता. कुरपण्यांत अचळय फुलां दवरपाची सोय आशिल्ल्यान निखट्यां हातांपरस कुरपण्यांतल्यान फुलां हाडप लोक पसंत करतात.

आदल्या तेंपार कोंडयाच्या वेळांचे सोबीत अशे वाटकुळ्या आकाराचे कुरपाणें आसताले, आनी ते कोंड्या वेळांच्यो वस्ती करपी म्हार समाजांतले लोक करताले. अशा कुरपण्यांक हातांत धरपाक वयले वटेनच्यान कोंड्या वेळांचें हात धरणें (handle) आसतालें. आनी तळाक कुरपणो स्थीर उबो धरपाक वाटकुळी बसका आसताली. आयच्या काळांत कोंड्या वेळांपरास मजबूत, सोबीत आनी धुवपाक मेळटात अशे स्टिलचे, तांब्या – पितळेचे, चांदीचे कुरपाणे वापरांत आसात.

– सं. मं.

कुरमा : साहित्य – ४ गाजर, ४ बटाट, ३ डब्बू मिरसांगो, १ मध्यम आकाराचो फ्लावर, १ वाटी सोल्लांचें ग्रीन पीस (शेंगाचें), १०० ग्रा. वालपापडी, ४–५ हरव्यो मिरसांगो, १ मध्यम आकाराचो नाल्ल (कातिल्लो), अर्दें आलें, १/२ चुडी ओली कोथमीर, ६–७ लवंगां, १०–१२ मिरयां, १/२ तिखी, १ चमचो खसखस, ११/२ चमचे काजुच्यो बियो, चिमटीभर साखर / गॉड, २ चमचें तेल / तूप, रूची पुरतें मीठ

रीत – खसखस आनी काजुच्यो बियो अर्दवरभर भिजत घालून बारीक वांटून घेवची. आलें, ओली, कोथमीर, लवंगां, मिरयां, तिखी आनी हरव्यो मिरसांगो बारीक वांटून घेवच्यो. गाजर, बटाट, डब्बू – मिरची आनी फ्लावर हांच्यो मध्यम आकाराच्यो फोडी करच्यो. कातिल्ल्या सोयेचो रोस काडचो.

तव्यार तेल वा तूप तापत दवरचें. तेल तापले उपरांत तातूंत शिनिल्ल्या गाजराच्यो आनी बटाटाच्यो फोडी घालच्यो. २–३ मिनटां परतुचो. उदक आनी रूची पुरतें मीठ घालचें. धाकणें धांपचें आनी शिजोवचें. गाजर आनी बटाट अर्द शिजल्ल्या उपरांत डब्बू मिरसांगाच्यो, फ्लावरांच्यो फोडी आनी ग्रीन पीस घालचें. ह्यो फोडी शिजत आयल्या उपरांत खसखस आनी काजू बियांची गुळी आनी आलें, ओली कोथमीर, लवंगां, मिरयां, तिखी आनी हरवी मिरसांगाची वांटून घेतिल्ली चटणी हातूंत घालची. कातिल्ल्या सोयेचो काडिल्लो रोसूय हातूंत घालचो. रूची पुरतें मीठ, साखक / गॉड घालचें आनी बरो खतखतो काडचो. खतखतो आयल्या उपरांत सकयल काडचें.

पाव वा चपाती लावन कुरमा खावं येता वा निखटो तोंडाक लावं येता

– सं. मं.

कुराण : मुसलमान धर्मांतलो एक धर्मग्रंथ. 'कर आ' (वाचप, म्हणप) ह्या अरबींतल्या धातुचें कृदंतरुप. 'कुर्आन' स्वयंसिद्ध कुराणाची मूळ प्रत आसा.देवान आपलो देवदूत गॅब्रिएल हाचेंवतीन मुहंमद पैगंबराकडल्यान हाचें दर सप्तकांत एकूण बावीस वर्साच्या काळांत (इ. स. ६१० ते ६३२) वाचन करून घेतलें, अशी मुसलमानांची श्रद्धा आसा. मुहंमदाच्या तोंडांतल्यान जो भाग वाचून घेतालो, तो ताचे आनुयायी रोकडोच पाठ करून घेताले आनी कांय वेळा ताडपत्राचेर बरोवन दवरताले. आदमपसून महंमदामेरेनच्या शेंकडच्यानीं प्रेषितांवतीन देवान आपलो दिव्य संदेश धाडिल्लो.



पूण लोक तो संदेश विसरताले आनी तातूंत सर - मिसळ करताले, म्हणून प्रेषित मुहंमदावतीन जो संदेश धाडलो तो संदेश अखेरचो म्हणून धाडलो. उपरांत परमेश्वर दुसरो कोणूच प्रेषित धाडचो ना आनी परत तोच संदेश धाडचो ना, अशीच धर्मश्रद्धा आसा. इस्लामाचे अनुयायी कुराण हो एक दैवी चमत्कार अशें मानतात. कुराणाचो उल्लेख 'अल् किताब', 'अल् - जिक्र' आदी. नांवांनीय करतात. तशेंच 'शरीफ', 'मजीद' वा 'पाक' हीं उपपदां लावनूय ताचो उल्लेख करतात. कुराणांतल्या दर एका श्लोकाक 'आयत' वा ह्या 'दैवी चमत्काराची खूण' अशें नांव दिलां. कुराणाची एकूण अक्षरसंख्या ३,२३,६२१ आनी शब्दसंख्या ७७,९३४ आसा. कुराणांत एकूण ३,२२६ आयते आसात आनी तीं ११४ प्रकरणांतल्यान विभागिल्लीं आसात. प्रकरणाक 'सूरा' अशें नांव आसा. 'सूरा' हाचो अर्थ विटेचो थर, निसण, सोंपण असो जाता. पयल्या सूरेक 'फातिहा' वा प्रारंभ अशें नांव आसा. हातूंत ईश्वराची प्रार्थना आसा. दुसऱ्या सूरेपसून ११४ व्या सूरेमेरेन (९ व्या सूरेचो आडवाद सोडल्यार), सुरवातेकूच 'परमदयाळू आनी कृपावंत परमेश्वराच्या नावान' अशे शब्द येतात. तशेंच दर एका 'सूरा' माक्केची कांय मदीनेची तेंवूय स्पश्ट केलां. कारण सबंध कुराणाचें वाचन मुहंमदाच्या तोंडांतल्यान दर सप्तकांत बावीस वर्सां चालू आशिल्लें. तातुंतलीं पयलीं बारा वर्सां मक्केंत आनी उरिल्लीं धा वर्सां मदीनेंत मुहंमदाचे वास्तव्य आशिल्लें. कुराणांतले श्लोक वा आयतां ह्यो कविता ते गद्य - काव्य असो प्रकार आसा. कुराणाच्या शैलीचें हें एक वैशिष्ट्य आसा. कुराणाची भास सामकी प्रभावी आसा आनी योग्य पद्धतीन कुराणाचे पठण चालू आसले, तर अरबी कळनाशिल्ल्या आयकुप्यांचेरूय प्रभाव पडटा, अशें खुबशा जाणांचें मत आसा. ती भास लयबद्ध आनी सामकी प्रवाही

आसून, अरबी गद्याचो जो आदर्श घालून दिला, ताचेंच अनुकरण आयजूय अरबी गद्यलेखक करतना मेळटात.

सर्वसामान्य मुसलमानांचेर कुराणाचो खूब मोठो प्रभाव आसा. पयलीं सांवन पडत आयला. तातुंतल्या विचारां इतकीच ताचे भाशेकय महत्व आसा. कुराणाक लागून अरबी भाशेचो खूब मोठो विकास जालो. भाशाशास्त्राच्या नदरेन अरबी भासेचो कुराण हो एक मोठो आधार आसा. इस्लामच्या पयल्या तीन – चार शेकड्यांतूच अरबी भाशा अरबस्ताना पलतडी सिरिया, इराक, जॉर्डन, ईजिप्त, उत्तर आफ्रिका आदी. प्रदेशांत पसरली.



कुराण – पठन

कुराणाचें आनीक एक वैशिष्ट्य म्हणजे तातूंत मुहंमद पैगंबराचे चरित्र आस्पाविल्लें आसा. धर्मप्रसाराच्या कामांत मुहंमदाआड आयिल्ल्यो अडचणी, लोकांनी विचारिल्लो शंकाकुशंका, ताका जाल्लो विरोध, कांय प्रमाणांत ताचें वैयक्तीक आनी कुटुंबीक जिवीत, ताणें केल्लो राजसत्तेचो वापर, ताणें मारिल्लीं झुजां, ज्यू आनी किरिस्तांव धर्माकडेन मुहंमदाचे संबंध आदी. अशे कितल्याशाच प्रकारचे तपशील कुराणांत मेळटात. मुहंमदाच्या मरणाउपरांत आयेशा हिणे तर मुहंमदाविशीं माहिती जाय जाल्यार, ती कुराणांत सोदात, अशें सांगिल्लें. कुराणामार्फत अल्लान मुहंमदाक खुबशा वेळा धीर दिलो, मार्गदर्शन केल्लें, लोकांनी विचारिल्ल्या प्रस्नांक जापो दिवंक आधार केलो आनी लोकांक कितें सांगचें, हाचो आदेशूय दिलो.

मुहंमदाकडेन मदीनेचे राज्य आयल्याउपरांत खुबशे कायदे ईश्वर प्रेरणेन अंमलांत हाडले. ह्या संबंधीय कुराणांत उल्लेख आसा. तेखातीर इस्लामी कायद्याक कुराण आधारभूत आसा. नीति–अनितिसंबंधी कुराणाची एक विशेश नदर आसा. ईश्वरी इत्सेमुखार पुराय शरणागती पतकरप, ईश्वराच्या आज्ञांचे पुरायपणान पालन करप, ईश्वरान निषिद्ध मानिल्ल्या आचरणापसून पयस रावप आनी जावपाची दर एक गजाल अल्लाच्या मर्जिनूच जाता, हाचेर घट विस्वास दवरप, हो कुराणाच्या मार्गदर्शनाचो सार जावन आसा.

कुराणाची भास ईश्वराची भास अशें धरिल्ल्यान, कुराणाचें भाषांतर हेर भासांनी जावप शक्यच ना. आनी तें तशें करचेंय न्ही अशें सनातनी अरबांचें मत आसा. तरी ९ व्या शतमानांत पयले फावट सिरीएफ भाशेंत कुराणाचो अनुवाद जायत सांवन ताचें संवसारांतल्या लागीं लागीं सगळ्या भासांनी अनुवाद जाल्यात. १० व्या शतमानांत लॅटीन भाशेंत, १७ व्या शतमानांत जर्मन, डच, फ्रेंच आनी इंग्लीश भासांनी, तर १८ व्या शतमानांत रशियन आनी हिंदुस्थानांत फार्सी भाशेंत आनी उपरांतच्या काळांत संवसारांतल्या हेर मुखेल भासांनी कुराणाचे अणकार जाल्यात. कोंकणी भाशेंत आख्खें कुराण आजुनतरी भाशांतर जालें ना आसलें, तरी कुराणाचे दोन वांटे कोंकणींत अणकारीत जाल्यात.

– सं. मं.

कुरूप, जी. शंकर : (जल्म : ३ जून १९०१, मरण : ?)

एक नामनेचे आधुनीक मल्याळम कवी. ताचो जल्म केरळांत, आदलो शंकराचार्याचे जल्मस्थान आशिल्ल्या कलडी हांगा एका खेडे गांवांत जालो. मल्याळम आनी संस्कृतचे शिक्षण जाल्या उपरांत एका शाळेंत ताणें मल्याळमचे शिक्षक म्हणून काम केलें. मुखार तो आपल्या बुद्धिमतान आनी प्रयत्नान प्राध्यापकाच्या हुद्यामेरेन पावलो.

आधुनीक काळांतलो एक प्रतिभासंपन्न कवी म्हणून ताका मल्याळम साहित्यांत एक म्हत्वाचे स्थान आसा. पोरन्या पारंपारीक मल्याळम काण्यांक ताणें नवीं शब्दकळा, प्रतिमासृष्टी आनी प्रतिकात्मकता हाचेवरवीं मानवतावादाच्या नव्या वातावरणांत हाडून नवचैतन्य प्राप्त करून दिलें. ताणें आपल्या काव्यांत आधुनीक विज्ञान आनी प्राचीन आध्यात्मीक विचारधारा हांचो सुंदर समन्वयक साधलो. कुरूप हाच्यो सुरवातिच्यो कविता 'साहित्य कौतुकम' (४ भाग) त संग्रहीत आसून त्यो पारंपारीक शैलींत आसात. ह्या काळांत ताचेर मल्याळम साहित्यांत 'थोर त्रयी' म्हणून नामना फाव जाल्ले तीन 'प्रतिभासंपन्न' कविंचो (कुमारन आशान, वळ्ळत्तोळ नारायण मेनन आनी उळ्ळूर एस्. परमेश्वर अय्यर) प्रभाव आशिल्लो. ह्या तिगांमदले वळ्ळत्तोळ हाच्या प्रभावांतल्यान ताणें आपली राष्ट्रीय कविता बरयली. ताणें भारतगौरवाची गीतां गावन, राष्ट्रवादी भावनेंत चैतन्य ओतलें. कुरुप हाचेर टागोराचो गुढवादी आनी प्रतिकवादी कवितेंचोय प्रभाव आसा. उपरांतच्या काळांत तो समाजवादाचो कडवे प्रतिपादक जाले. ताची 'नले' ही क्रांतिकारी कविता उजवाडाक आयली. उपरांतच्या काळांतूय ताची कविता आनीक बौद्धीक आनी चिंतनपर जाल्ल्यो. आंतांमेरेन मल्याळम काव्यांत प्रतिकवादाचो ताचे इतलो सुंदर आनी प्रभावी उपेग दुसऱ्या खंयच्याच कवीन केलोना.

आजमेरेन ताचें विसांवयर काव्यसंग्रह उजवाडाक आयल्यात १९५० वर्सा 'ओतक्कुळल' ह्या ताच्या फकत साठ कवितांच्या संग्रहाक भारतीय ज्ञानपीठाचे इनाम मेळले. १९६१ वर्सा 'पाथेयम्' हो ताच्यो १३५ कवितांचो संग्रह दर्जेदार आसून तातूंत ताचे प्रतिभेचे विविध पैलुंचे सुंदर अविष्कार दिसतात. १९६५ वर्सा 'विश्वदर्शनम्' आनी १९५० वर्सातलो 'ओतक्कुळल' ह्या कविता संग्रहाक भारतीय ज्ञानपीठाचो इनाम १९६३ वर्सा फाव जालें. हेभायर 'सूर्यकांति', 'मुत्तुस्सिप्पि' आनी हेर ताचें काव्यसंग्रह उल्लेख करपासारकें आसात. कालिदास, भास, रवींद्रनाथ टागोर, उमर खय्याम हाच्या काव्यांचे ताणें मल्याळम भाशेंतल्यान अणकार केला. कुरूप हाणें आपल्या बरपांतल्या मलयाळम साहित्य उदरगतिच्या पावंड्यार हाडपाक दिल्ल्या योगदानाखातीर ताका एक म्हत्त्वाचे स्थान दिलां.

– सं. मं.

कुर्रेय, आफोंसु, पेद्रु पाउलु ब्राज : (जल्म : २९ जून १८९२, मरण : १४ फ्रेब्रुवारी, १९६५)

एका नामनेचो कोंकणी पत्रकार. ताच्या बापायाचें नांव रॉक आनी आवयचे क्लाउना पाशेको कुर्रेय, हाका १९१८ वर्सा, मार्च म्हयन्यांत मुंबय विद्यापिठाची, कृषी विज्ञानाची पदवी मेळिल्ली. बरें गूण मेळिल्ल्यान पुण्याच्या शेतकी महाविद्यालयांत ताचें नांव मानादिकांचे वळेरेंत आसा.

१९१८ ते १९३१ वर्सामेरेन असोळणें गांवचो तो शासक आसलो. उपरांत तो तेरसैरा सिरकूनश्क्रिसांव आग्री कोला, मडगांव (Terceira Circunscricao Agricola) हे संस्थेचो मुखेली जालो. ३० वर्सां नोकरी केल्याउपरांत १९४९ वर्सा तो निवृत्त जालो. असोळणें, वेळ्ळी आनी आंबेली हांगा सरकारी जमनींत माडाच्या पिकाची उदरगत केली.

कुर्रेय, एक खर राष्ट्रवादी आसलो. पोर्तुगेज अव्हीद (A vida) खबरापत्रांखातीर १९५० ते १९६० वर्सा मेरेन अव्हीद (A vida) ताणे बरपावळ केल्या. गोंयच्या कोंकणी भाशा मंडळाची थापणूक १९६२ वर्सा जाली तेन्ना तो त्या मंडळाचो संस्थापक अध्यक्ष आसलो. तेन्ना ताणे कोंकणी कार्यकर्त्यांचो पंगड तयार करून कोंकणी भास आनी साहित्य हाचें उदरगतीक हातभार लायलो. १९६२ वर्सा मडगांव भरिल्ले आठवें कोंकणी परिशदेचो येवकार अध्यक्ष आसलो.

शेतवडिचीं उपकरणां, रसायनीक सारीं, किटकनाशकां आनी शेतवडिच्या मळार यांत्रिकीकरण करपांत ताचो महत्वाचो वांटो आसलो. १९४१ ते १९४७ वर्सामेरेन सालसेत नगरपालिकेचेवतीन ताणें घाण आनी कोयरापसून सारें करपाची पद्धत सुरू केली. तशेंच देवी, रॅबिज असल्या दुयेंसांचेर खर उपाय काडले. मडगांव वाठारांतली येरादारी वेवस्था आनी गटार वेवस्था ताणें सुदाराक हाडली.

१९१९ वर्सा, तेन्नाच्या गोंयच्या कृषी आनी रानखात्याच्या निर्देशकान कुर्रेय हाका ऊं गनेज सॅति पश द सॅति काबेसाश' (Um Ganez de sete pese sete Cabecas) (सात पायांचो आनी सात तकल्यांचो गणेश) अशें म्हूण ताचो भोवमान केलो. नाल्लाचे उदरगतिच्या संस्कृतीक, वेपारी आनी उद्येगीक आंगाचो अभ्यासाक लागून गोंयच्या गवर्नर जनरलान श्रीलंकेंत गेल्लेकडेन ताचो. भोवमान केलो.

– सं. मं.

कुर्रेय, चार्लस मार्क : (जल्म : १ सप्टेंबर १९३०, सिकंदराबाद)

नामनेचो गोंयकार स्थापत्य शास्त्रज्ञ. तो मिशिगन विद्यापिठांत पदवीधर जालो (१९४९-१९५३). ताणे 'मॅसेच्युसॅट्स इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी' हातुंतल्यान मास्टार ऑफ आर्किटॅक्टर ही पदवी घेतली (१९५३-१९५५). १९५८ ते आयजमेरेन खाजगी प्रॅक्टीस करता. नवें मुंबय शार बांदपाचे येवजणेंत ताचो हात १९६४-१९६५ हे वर्साभितर आसा. १९७०-७१ वर्सा संयुक्त राश्ट्र संघान आनी पेरू देशाच्या सरकारान ताका लिमा शारांत घर बांदप येवजण करपाखातीर आपोवन व्हेलो. १९७१-७४ वर्सा महाराष्ट्र सरकाराचे नवी मुंबय बांदपाचे येवजणेखातीर केल्ल्या CIDCO मंडळाचो मुखेल स्थापत्यशास्त्रज्ञ १९७१-१९७४ वर्सा आशिल्लो. १९७५ ते १९८३ मेरेन मुंबयच्या हाऊसिंग अर्बन

रिन्युअल ॲण्ड इकॉलॉजी बोर्डाचो अध्यक्ष आसलो. १९८५ ते आयजमेरेन भारत सरकाराच्या नॅशनल कमीशन ऑन अर्बनायझेशनचो अध्यक्ष. ताणें MIT (१९६२) आनी लंडन विद्यापीठ (१९७४) ह्या संस्थांनी अध्यापन केलां. तशेंच १९८५ वर्सा इंग्लंडच्या कॅम्ब्रिज विश्वविद्यालयांत नेहरू प्रोफेसर म्हणून काम केलां.

गुजरात हाऊसिंग बोर्डान येवजिल्या अखिल भारतीय सवाय घर बांदणे – सर्तींत पयलें इनाम फाव जालें. १९७२ वर्सा भारताच्या राश्ट्रपतीन ताका पद्मश्री आनी २००६ त पद्मविभुषण हो किताब दिलो. तशेंच ताका रॉयल इन्स्टिट्यूट ऑफ ब्रिटीश आर्किटॅक्टस् हे संस्थेन १९८४ वर्सा रॉयल गोल्ड मॅडल फॉर आर्किटेक्चर हें पदक भेटयलें. फ्रांसाचे स्थापत्यशास्त्र अकादेमीन ताका आपलो वांगडी करून घेतलो. आपल्या वावराचीं ताणें अमेरिका, व्हेनीस, लंडन, पारीस, हांगा प्रदर्शनां भरयलीं. १९९० त VIA हे संस्थेन ताका भांगराचें पदक भेटयलें. १९९४ ताका जपानाचो 'प्रिमियर इम्पोरियल' पुरस्कार फाव जालो.. २०१० त गोंय सरकारान 'गोमंतभूषण' पुरस्कार दिवन तांचो भोवमान केलो. गोंय सरकाराच्या पणजेच्या कलाअकादमी संकुलाचो आराखडो ताणेंच तयार केला. मोनिका सिकैरा हिचे लागीं १९६१ वर्सा लग्न जालें. ताका दोन भुरगीं आसात.

– सं. मं.

कुर्डीकार, मोगुबाय : (जल्म : १४ जुलय १९०४, कुर्डी – सांगे गोंय)

कुर्डीकार, गोंयची नामनेची शास्त्रीय संगीत गायिका. तिची आवय जयश्री बायन आपल्या चलयेची संगितावटेन आशिल्ली ओड, आवड आनी ते पिरायेंतलें तिचें गायन पळोवन तिका शास्त्रीय संगीत शिकोवपाचें थारायलें आनी मोगुबायक पर्वत पाड्डेंचो खांपो कलाकार बाळकृष्णबुवा पर्वतकार हाचेकडेन मुळावें शिक्षण घेवपाक धाडलें. बाळकृष्णबुवाची गोंयांत आनी गोंयाभायर नांवाजिल्ली 'चंद्रेश्वर भूतनाथ संगीत मंडळी' आसली, तातूंत १९११ वर्सा मोगुबायन प्रवेश केलो. मोगुबायक संगीत शिक्षणवांगडा नाटकांतूय काम करपाची संद मेळ्ळी. पिरायेच्या ९ व्या वर्सा (१९१३) मोगूबायन 'चंद्रेश्वर भूतनाथ संगीत मंडळा'च्या नाटकांत कामां केली. उपरांत हें मंडळ बंद पडिल्ल्यान मोगुबाय १९१७ ह्या वर्सा 'सातारकर स्त्री संगीत मंडळी'त प्रवेश केलो. हे मंडळींत चिंतुबावा गुरव हाचेडल्यान तिणें शास्त्रीय संगिताची तालीम घेतली आनी रामलाल हाचेकडल्यान कथ्थक नृत्याचें शिक्षण घेतलें. त्या काळांतले हे दोनूय नामनेचे सर्वमान्य पंडित आसले.

संगिताचे खोलायेन शिकप घेवपाचे इत्सेन ती सांगलीक गेली आनी हैदराबादचे खाँसाहेब इनायत खाँ पठाण हाचेकडेन १९१९ वर्सा शिक्षण घेतलें.

गायन करताना मोगुबाय कुर्डीकार

आपल्या गुरुकडल्यान मेळयल्ली विद्या तिणें जिवी दवरली. ताचे उपरांत १९२० ह्या वर्सा, सांगली हांगा जयपूर घराण्याचे विख्यात गायक अल्लादिया खाँ हाणें सतत दोन वर्सां गायनाची तालीम दिली. १९२२ मेरेन मोगुबायन मुंबयत वचून देड वर्सां, खाँ साहेबाकडल्यान परत तालीम घेतली. त्याच वर्सा लयब्रह्म भास्कर सर्गेस्त खाप्रूमाम पर्वतकार हाचेकडल्यान लय तालाचे मार्गदर्शन मेळिल्ल्यान अर्धमात्रा, पावमात्रा दाखोवपी तराणेय ती सहज गायता. १९२४ ह्या वर्सा, आग्रा घराण्यांतले बशिर खाँ हांचेकडेन तांणें दोन वर्सा संगिताचे शिक्षण घेतले. उपरांत १९२६ त मोगुबायन साहेब विलायत खां हाचो गंडो बांदलो. १९२७ मेरेन फुडल्या पांच वर्सां खाँ अल्लादिया खाँचे बंधू हैदर खाँ हाचेकडेन ताणें संगिताची तालीम घेतली.

१९३४ वर्सा, खाँसाहेब अल्लादिया खाँ हाचेकडल्यान मोगुबायन परत एक फावट तालीम घेवपाक सुरवात केली. १९३५ वर्सा, मोगुबायचें गंडाबंधन जालें. १९४० वर्सा, सांवन मोगुबाय भारतभर संगिताच्यो कार्यावळी, आकाशवाणीचेर गायनां तशेंच तिच्या शिश्यांक मार्गदर्शन दिवपाचें काम ती करताली. तिच्या शागिर्दाभितरले महत्वाचे शागीर्द म्हळ्यार तिची चली पद्मभूषण किशोरी आमोणकार, प्रख्यात संगीतज्ञ, संगीत समीक्षक आनी उत्कृश्ट मार्गदर्शक वामनराव देशपांडे, कमल तांबे, कौशल्या मंजेश्वर, सुशीलाराणी पटेल, सुहासिनी मुळगांवकार, पद्मा तळवलकार, सुलभा पिशवीकार आनी हेर.

जयपूर घराण्यांतल्या गायिकेचो विशेश गूण म्हळ्यार स्वर आनी लयी अभिन्नता आनी कितलिशींच वैशिश्ट्यां मोगुबायच्या गाण्यात दिसून येतात.

१९२३ वर्सा, मोगुबायचें माधवराव भाटिया हाचेकडेन लग्न जालें. नामनेची शास्त्रीय गायिका किशोरीबाय आमोणकार आनी ललिता कुर्डीकार ह्यो धुवो आनी उल्हास हो तिचो पूत आसा. माधवराव हाका १९३९ वर्सा अचकीत मरण आयल्या उप्रांत

मोगुबायक संसारीक विरक्ती आयली. तरी आसतना तिणें संगितांतली साधना तशीच दवरली. तिची कडकडीत आचार संहिता, विशुद्ध संगीत आनी धवल चारित्र्याक लागून तिका 'गानतपस्विनी' अशी उपाधी लोकांनी दिली.

धार्मीक वृत्तीचे मोगुबायचो, तिच्या गांवघरा कुर्डीच्या ग्रामदेवाचेर, रवळनाथाचो खूब भावार्थ. ह्याच भावार्तन तिणें १९६५ वर्सा रवळनाथ देवाच्या देवळाचो स्वखर्चान जिर्णोद्धार केलो.

मोगुबायचे संगितकले साधनेचो भोवमान म्हणून तिका जायते राज्य आनी राष्ट्रीय पुरस्कार प्राप्त जाले. संगीत अकादेमीचो पुरस्कार (१९६८), भारत सरकारचो पद्मभूषण (१९७४), दिल्ली विद्यापिठाचो 'संगितोत्मा', मध्यप्रदेश सरकारचो 'तानसेन' पुरस्कार प्रसिद्ध गायिका माणीक वर्मा हांच्या नावान दवरिल्लो पयलो 'माणिकरत्न' पुरस्कार (१९९७) हे तांच्यामदले कांय मुखेल पुरस्कार आसात.

– सं. मं.

कुर्लो : पळयात : कुल्ली

कुलाबा : महाराष्ट्राच्या पश्चीम दिकेक आशिल्ल्या अरबी समुद्राक आस्पावपी कोंकणी भागांतलो एक जिल्लो. १७.५२ 'उत्तर ते १९.३' उत्तर आनी ७३.२ 'पूर्व ते ७३.७ पू', क्षेत्रफळ ७,०२४ चौ. कि. मी. लोकसंख्या १२, ६१, १५६ (१९७१). ह्याचे पश्चिमिकडेन अरबी समुद्र, वायव्येस खाडीकडेन बृहन्मुंबय, उत्तरेक ठाणे, पुर्वेक पुणे, आग्नेयीस सातारा आनी दक्षिणेक रत्नागिरी जिल्ल्याचो आस्पाव जाता. दक्षिणोत्तर १६० कि. मी. आनी पूर्वपश्चीम २५–५० कि. मी. अंतर आशिल्ल्या ह्या जिल्ल्याक सु. २४० कि. मी. दर्यादेग लाभल्या. ह्या दर्यादेगेलागसार उंदेरी, खांदेरी, एलेफंटा म्हळ्यारूच घारापुरी, करंजा, न्हावे, शेवा अशें कांय ल्हान ल्हान जुंवे आसात. दर्यादेगेलागसार आशिल्ले उरण महाल, अलिबाग तालुको, मुरूड महाल, श्रीवर्धन महाल, पनवेल, पेण, रोहा आनी म्हसाळे महाल, कर्जत, खालापूर, सुधागड महाल, पोलादपूर महाल, महाड आनी माणगांव ह्या दोंगराळ तालुक्यांनी कुलांबा ह्या जिल्ल्याचे हेर भाग आस्पावन घेतल्या.

कोंकणांतल्यान देशाच्या हेर सुवातिंनी वतना भीमाशंकर, कोळंब, जावळा कसूर, राजमाची, बोर, पिंपरी, लिंग, देव, कुंभ, कावळ्या, शेवत्या, मढ्या, भोप, वरंधा, कामठा, ढवळा, फिट्झजेराल्ड म्हळ्यारूच आंबेनळी आनी पार अशें कांय घाटांचे आस्पाव ह्या जिल्ल्यांत आसा.

ह्या जिल्ल्याच्या उत्तर भागांत उल्हास, पोशीर, शिलर, पेज, पाताळगंगा, बाळगंगा, भोगावती, कामगंगा, कासडी, कामरंगा, अंबा, मध्य भागांतले कुंडलिका आनी मांदाड आनी दक्षीण भागांतले सावित्री, गांधार, घोड, काळ, नागेश्री आदी न्हंय देगाणांनी आस्पावन घेतला. दर्यादेगेलागसार आशिल्ले उरण, करंजा, धरमतर, रेवदंडा, जंजिरा, बाणकोट अशो खाडी नाजाल्ल्यान थंय कांय बंदरांतल्यान जलवाहनांच्यो येरादारी जाल्ल्याचे दिसून येता.

उशण – दमट हवामान आनी उटंगराचो पडपी पावसाक लागून हो जिल्लो बरोच फामाद आसा. हांगाच्या हवामानाचो तापमान सु. २६.४° सें. ते ३१.७° सें. मेरेन आसता. ९.४° से. परस कमी

म्हळ्यार ४० से. परस चड ह्या जिल्ल्यांत तापमानाची नोंद जाल्ली ना. मोसमी वाऱ्यांपसून वर्सभर सु. २००-३५० सें. मी. पावस ह्या जिल्ल्यांत पडटा.

कुलबा जिल्ल्याचो २३ टक्के भाग जंगलयुक्त आशिल्ल्यान तातूंत वेगवेगळ्यो झाडांच्यो जाती सापडटात. दर्यादिगेलागसार ताड, माड, नाल्ल, सुपारी, काजू,पणस, पेर, लिंबू सारक्या जातिंची फळझाडां आनी कच्छवनश्री (कच्छ भागांतली झाडां) पळोवंक मेळटा. तशेंच दोंगराळ वाठारांनी सागवान, ऐन, शिसवी, खैर, आंबो, रक्तचंदन, रिठो, शिकेकाई, चींच आदी अशीं झाडां पळोवंक मेळटा. जळव, आद्योगीक गरजो, वखदी आनी फळां खावपाखातीर ह्या झाडांचो उपेग करतात.

झाडांप्रमाण हांगा मोनजातीय पळोवंक मेळटा. माकड, रानडूकर, मुंगूस, जिवाणीं आदी अशो मोनजातिची जाती सापडटात. बकें, कबुत्तर (पारवो), रानकोंबो, घोण, सुतार आदी सारकीं सवणीं तशेंच हेर किटकांच्यो वेगवेगळ्यो जाती नदरेक पडटात. बांगडे, मोरी, विस्वण आनी हेर जातिंची नुस्तींय हांगा व्हडा प्रमाणांत मेळटात.

कुलाबा जिल्ल्यांत भातांची पिकावळ जाताच, तेभायर नासणें, जोंदळे, तोरची दाळ, मूग, तीळ, मिरसांगो आदी अशा सारक्या म्हत्वाच्या कड्डणांची पिकावळ जाता. तशेंच नाल्ल, सुपारी, आंबे, काजू, अनस, काळींग आदी अशी फळां जावपी कुळागरांय हांगा दिसतात.

नाल्ल, आंबे, कुडाच्या छप्पराची घरां, शीत आनी नुस्तें अशें जेवण, कंबराक ल्हान धोतर न्हेशिल्लो शेतकार तशेंच हांगा आशिल्लीं जनावरां हेंच ह्या गांवगिऱ्या वाठाराच्या लोकांचो भेस, खाणां - जेवणां आनी घरांचे वर्णन आसा.

ह्या जिल्ल्यांत प्रामुख्यान हिंदू लोक आसून मुस्लीम, नवबौद्ध, जैन, शीख, पारसी आदी सारक्या धर्मांतले लोक पळोवंक मेळटा. पनवेल, खोपोली, महाड, उरण, श्रीवर्धन, अलिबाग, पेण, मुरूड, रोहा, अष्टमी, नेरळ, रेवदंडा, कर्जत, माथेरान आनी रसायनी हीच ह्या जिल्ल्यांतली शारां.

कुलबा वाठारांतलो निसर्गरम्य अशा सैमाक लागून तशेंच हांगा आशिल्ल्या घाटांक, झाडांक - रुखांक, मोनजाती, सवणी आनी जिल्ल्यांत आस्पावपी हेर सुंदर रचनेक लागून कुलाबा जिल्ल्याचे म्हत्व खुबूच वाडपाक लागलां.

- सं. मं.

कुल्ली (कुर्लो) : भायलो आकार तांबोडो वाटकुळो जाचेर थिपके आनी आंगार निबर अशी कांट्यारी देग आशिल्लें कल्ल तशेंच धा दांगे (पांय) आशिल्ले ह्या प्राण्याक कुल्ली अशें म्हणटात. मराठींत हिका 'खेकडा', जाल्यार इंग्लिशींत 'क्रॅब' ह्या नांवान वळखतात. क्रस्टेशिया वर्गांतल्यो, मॅलॅकोस्ट्रॅका उपवर्गांतल्यो, डेकॅपोडा गणांतल्यो आनी ब्रॅकियुरा ह्या उपगणांत ह्यो कुल्लो सापडिल्ल्यो दिश्टी पडटात.

कुल्ल्यो जगांत सगळ्याक मेळटात. कांय कुल्ल्यो दर्यांत वा साव्या उदकांत मेळटात जाल्यार कांय कुल्ल्यो भूचर (जमनीर रावपी) आसतात. भूचर कुल्ल्यो उशण प्रदेशांत खूब प्रमाणांत मेळटात. त्यो दर्यांतूय वतात कारण तांच्या जिवितांतली मुळावी अवस्था (डिंभावस्था) दर्यांत घडटा. कुल्ल्यांचो सुमार ४,५०० जाती आसात. त्यो वेगवेगळ्या आकारांच्योय आसतात. 'पी क्रॅब' जातिची कुल्ली

१.६ मि. मी. आकाराची आसता. भारतांतल्या चिल्का तळ्यांत मेळपी 'सिला सेरॅटा' हे जातिचे कुल्लेची रूंदाय ४६ से. मी. इतली आसता. कुल्लेच्या आंगार निबर अशी कांटयारी देग आशिल्लें कल्ल आसता. हें कल्ल कुल्लेक संरक्षण दिता. कांय वेळार कुल्ली कल्ल सोडटा तेन्ना पर्थून तिच्या अंगार नवें कल्ल चडटा.

कुल्लेच्या पेंद्याक व्हडल्या आनी ल्हान आकाराचे दांगे मेळून आठ जोडयो आसतात. हातंतुल्यो पयल्यो तीन जोडयो कल्यान घट्ट आसून तांचो उपेग अन्न हाताळपाखातीर जाता. हेर पांच जोडयांचो म्हळ्यार 'पांखुल्ला' चो उपेग चलपाखातीर जाता. हातुंतले पयले जोडयेंतले पांय हेर पांयांपरस मोटे आनी भक्कम आसून तांकां 'दांगे' म्हणटात.



खडपी कुल्ली

कुल्ल्यो चड करून हळू चलतात पूण त्यो तुरूतुरू करून धांवकूय शकतात. पोर्ट्यूनिडी कुळाच्यो कांय कुल्ल्यो उदकांत पेवंक शकतात. कुल्ल्यो जितें भक्ष्य खातात. कांय कुल्ल्यो उदकांतल्यो वनस्पती खावपी आसतात. कुल्ल्यांच्या पोटाक 'पेंदो' अशें म्हणटात. तांच्या दोळ्यांक देंठांसारखे भाग आसून दोळे सगळेवटेन घुंवडावपाक शकतात आनी जाय तेन्ना कट्टय्याच्या (Carapace) फुडल्या भागांत आशिल्ले खांची भितर ओडून घेवंक मेळटात. कुल्लेंचे आनी दोन प्रकार आसात.

१) नाल्लखावपी कुल्ली २) शंखवासी कुल्ली

१) नाल्लखावपी कुल्ली – ॲनोम्यूरो उपगणांतली, सीनोबायटिडी कुळांतली ही कुल्ली आंगान मोटी आसता. हांची लांबाय ३० सें. मी. परस चड आसता. हिंदी म्हासागर आनी पॅसिफीक म्हासागराच्या द्विपांत ही कुल्ली मेळटा. जमनींत बिळां करून रावतात. रातची माडाचेर चडून नाल्ल सकयल उडयता. नाल्लाचें सोण्ण काडून आपल्या मोट्या नाखटान नाल्ल्याच्या दोळ्यांचेर घाव घालून तो फोडटा आनी आनी नाखटान नाल्लाचें खोबरें भायर काडून खाता. चोरून नाल्ल खावपाचे संवयेक लागून हिका 'चोर कुल्ली' अशें म्हणटात. हे कुल्लेंत खूब तेल सांठयल्लें आसता. एके कुल्लेपसून सुमार एक लिटर तेल मेळटा.

२) शंखवासी कुल्ली – डेकॅपोडा गणांतल्यो, ॲनोम्यूरा उपगणांतल्यो ह्यो कुल्ल्यो. ही कुल्ली दर्यादेगेर पळोवंक मेळटा. पोट मांसाळ आसता. आपली राखण करून घेवपाखातीर ही कुल्ली एकाद्या उदरपादाचो (गॅस्ट्रोपॉड प्राण्याचो) रिकामो शंख सोदून काडून तातूंत रावता. पांखुल्लांची सवी जोडी शंखाक घट्ट धरता आनी पोट शंखांत घट्ट बसता. कुडीची पुराय वाड जातकच ही कुल्ली पोरनो शंख सोडून आपल्या आकारमानाप्रमाण नवो शंख

सोदून काडटा आनी तातूंत रावता. हे कुल्लेचें पोट शंखांत आसता आनी तकली भायर आसता. ही कुल्ली जाय तेन्ना तकली भितर ओडून घेता आनी शंखाचें दार नाखटान बंद करता. शंखवासी कुल्ल्यो शंखाच्या भायल्या भागार स्पंज, हायड्राइट वा दर्यांतले वनस्पतिची खूब वाड जाल्ली आसता. शंखवासी कुल्ली हे सगळे प्राणी आपले राखणेखातीर पोसता. कुल्लेच्या अन्नांतलो कांय वांटो तांकां मेळटा आती ते प्राणी कुल्लेची दुस्मानापसून राखण करतात. उश्ण कटिबंधांतल्यो 'सीनोबॉयटिडी' कुळांतल्यो शंखवासी कुल्ल्यो खुबदां दर्यापसून पयस जमनीर येतात पूण परत तीं दर्यांत धावतात.



पिसोळी कुल्ली

भक्ष्य धरप, दुस्मानाचेर झडप घालप आनी आपली राखण करून घेवप हें नाखटांच्या दांग्यांचे काम जावन आसा. पिलोथेरीस ही ल्हान कुल्ली कालवांच्या करपांभितर वा तिसरेच्या शिंपयेभितर 'सहभोजी' म्हूण रावन कालवाच्या अन्नाचो वांटो आपूण होता. चडशो कुल्ल्यो आपल्या कट्टयाचेर दर्यांतली वनस्पत, स्पंज आदी वाडोवन, दुस्मानाक दिसूंक फावना अशे तरेन आपली राखण करून घेतात.

भारतांत व्हड प्रमाणांत कुल्ल्यो धरपाचो वेवसाय चलता. भारतांतल्या सिला सेरॅटा, नॅपच्यूनस पेलॅजिक्स आनी पॅराटेलफ्यूजा स्पिनीजेरा (साव्या उदकांतली) ह्यो कुल्ल्यो धरपाचो वेवसाय चलता. गोंयांत मेळपी कुल्ल्यांमदीं मुखेल प्रकार म्हळयार - सावी वा खारी खडपी कुल्ली. लांब दांग्यांची आनी थिपक्या थिपक्यांची दर्यांत मेळपी पिसोळी कुल्ली. दर्यादेगेर आनी व्हाळांदेगेर मेळपी 'जांगुल्ली' ही भूचर कुल्ली. बारीक आकाराची कुल्ली खूब फावटी तिसरेंत (शिपयेंत) मेळटा. ही कुल्ली तिसरेंतल्या मासांचेर जियेता आशिल्ल्यान ती बेंदुल्ल (Parasite) कशी जियेता.

गोंयांत चोडणेच्यो, कुंडयच्यो आनी काणकोणच्यो कुल्ल्यो सुवादीक आसतात. गोंयचे लोक मसालो घालून कुल्ल्यांचे तोणाक, सुकें, हुमण तशेंच कुल्ल्यो तळून आनी हेर कुल्ल्यांचे प्रकार करून खातात. अशेतरेन मनीस कुल्ल्यांचो उपेग खावपाखातीर करता. गाबणे कुल्लेंत गाब (लाख) आसता तिका लाखेची कुल्ली म्हणटात. तिका रूच आसता आनी लोक ती आवडीन खाता

– सं. मं.

कुल्ल्यांचे सुकें : साहित्य – १० कुल्ल्यो, ५ मोठे कांदे (आडवे चिरिल्ले), २ हरव्यो मिरसांगो, २ चमचे मिरसांगाचो पिठो, १ चमचो हळडिचो पिठो, १ वाटी सोय, २ चमचे तेल, ४

भिंड्डाची सोलां, १ चमचो गरम मसालो, रूची पुरतें मीठ

रीत – कुल्ल्यो उजरावन बऱ्यो धुवन घेवच्यो.

एका आयदनांत तेल घालचें. तेल तापल्या उपरांत कांदो, हरव्यो मिरसांगो तळसून घेवच्यो. तळसून जाल्या उपरांत तातूंत कुल्ल्यो घालच्यो आनी दोन वाटी उदक घालून वयर धापणें धापचें. कुल्ल्यो शिजल्या उपरांत धापणें काडचें. कुल्ल्यांचो रंग बदलतकच कुल्ल्यो शिजल्यो अशें समजुपाचें. मिसांगाचो पिठो, हळडिचो पिठो, सोलांचे बारीक कुडके केल्ले, गरम मसालो आनी रूची पुरतें मीठ घालचें आनी बरो खतखतो काडचो. खतखतो आयल्या उपरांत हें सकयल काडचें. कुल्ल्याचें सुकेंपाव वा चपातेवांगडा खातात तशेंच तें जेवणा वेळार तोंडाक म्हणूनय खातात.

– सं. मं.

कुवाडें : पळयात : उमाणें

कुवाळो : हिंदी – कुम्हडा, गुजराती – भुरा कोळू, कन्नड – संडिगे बुडेकुंबलकाई, संस्कृत – कुष्मांड, इंग्लीश – व्हाइट गोर्ड मेलॉन, लॅटीन – बेनिन्कॅसा सेरीफेरा,

एक व्हड पावसाळी वेल. ही वेल सुमार १ वर्सामेरेन जगता. हाची फुलां व्हड, एकलिंगी आनी रंगान हळडुवी आसता. लांबट, गोल, रसाळ, लवदार अशा पाचव्या फळाचो पिकल्या उपरांत रंग धवो जाता. ह्या फळांचे वजन सुमार २ कि. ग्रॅ आसता. तीं शीतळ आनी पोश्टीक आसता.

दर्यादेगेपसून १,२०० मी. चड उंचायेच्या गरम हवामानांत हाचे पीक जाता. हे वेलिच्या पिकावळीक लागून जमनीक आळी करून भरपूर शेण सारें घालून पावसाळ्यांत दर एका आळ्यात चार ते पांच बियो लायतात. दोन तीन सप्तका उपरांत आळ्यांत दोन रोपे लावन उरिल्ले काडून उडयतात. उपरांत जाय तितलेंच उदक शिंपतात. उपरांत वेलीक दोन–अडेच म्हयन्यांनी फळां येवपाक लायतात. उपरांत तीं दोन–अडेच म्हयन्यांनी पिकतात. वेलीर पिकिल्ली हीं फळां चड काळ मेरेन तिगतात. कोंकणांत कुवाळ्याची वाल घरार चडोवन पीक घेवपाची पद्दत आदिपासून आसा. माटवार वाल चडोवनय हे पीक घेतात. ही वेल मूळ जपान आनी जावा सारक्या देशांतल्यान आयिल्ल्यान तिचो प्रसार हळूहळू भारतांत जावपाक लागलो.

ह्या कुवाळ्यापसून पंजाबांत मिठाई (पेठा) तयार करतात. जाल्यार महाराष्ट्रांत कुवाळ्यांचो पाक तयार करतात. भाजी, सांडगे, पापड आदी सारक्या पदार्थांनी कुवाळ्याचो उपेग करतात. कुवाळ्यांत आशिल्ल्या बियांपसून तेलूय काडटात. चित्तभ्रम, अपस्मार आदी विकारांचेर ह्या फळांचो रस (कोडो) बरो गूण दिता.

कुवाळ्याची वाल घरार चडटकीर तिका घर भर कुवाळे लागता. कांय कुवाळे पाडसार जाता. पाडसावयल्या कुवाळ्याची जशी वाड जावंक लागता तसो तो एक तर पाड्याचे आयलेवटेन, नातर पयलेवटेन (हेवटेन वा तेवटेन) लवंडटा. हाचेवयल्यान, एक थीर मत वा वागणे नाशिल्ल्या मनशाखातीर 'पाडसावयलो कुवाळो' ही ओंपार मारता.

भूंय कुवाळो : (हिंदी – बिलाइकंद, गुजराती – भोंय कोहळू, कन्नड – निळ – कुंबंळा, संस्कृत – भूमिकुष्मांड, लॅटीन – आयमोमिया डिजिटॅटा.)

वर्सान वर्स जमनीर जियेवपी एक वेल. हे वेलिची मुळां लांब आनी गांठाळ आसून तीं खोल जमनींत रिगतात. हे वेलिचीं पानां व्हड,साधी, लांबायेपरस रूंदाय चड, हाता आकाराचीं ५–७ खंड आनी पानांचेर आशिल्ल्यो बारीक मोठ्यो शिरोय दिसतात. ह्या पानांच्या देठालागसार येवपी दुसऱ्या देठाक मोटिशीच फुलां फुलतात. ही फुलां जुलै ते सप्टेंबर मेरेन फुलतात. ह्या फुलांचो रंग जांबळो आसता. हे वेलिची गांठाळ मुळां, पानां आनी फुलां वखदी आसात.

दर्यादिगे लागसार आशिल्ल्या प्रदेशांनी चडकरून कोंकण, कारवार, वेंगुर्ला आदी सारक्या सुवातिंनी ही वेल पळोवंक मेळटा.

– सं. मं.

कुसडी (कुसर) : (मराठी – कुसर, हिंदी – चमेली, संस्कृत – माधवी, लॅटीन – जॅस्मिनम मलबॅरिकम, कूळ – ओलिअसी)

एक वखदी वेल. हे वेलीक कुसरां, हुसडी ह्याय नांवांनी वळखतात. हाचें खोड सुमार २० सें. मी. लांबायेचे आसता. हाची पानां पातळ, रूंद, तांतयां आकाराची, लांबट आनी केन्नाय काळजा आकाराची आसता. हे वेलीक धव्या रंगाची आनी वासाळ फुलां येतात. ह्या फुलांक ६–१० पाकळ्यो आसता, आनी त्यो तोंकाद आसतात. तीं मार्च – मे म्हयन्यांत फुलतात. हे वेलीक फळांय लागतात. तिका कुसडेचीं फळां म्हणटात. तीं तन्नीं आसतना पाचवीं आसता आनी पिकल्या उपरांत तीं जांबळ्या रंगाची जाता. हीं फळां एप्रील – सप्टेंबर म्हयन्यांत लागतात.

हें वेलिची लागवड करतना जमीन बरी खणून, तिका सारें घालून सुमार २–३ मी. अंतराचेर कलमां लावन तिची लागवड करतात. ही वेल माडार, माटवार वा जाळयेचेर चडयतात. ह्या वेलिच्या पानांचेर चितो बसपाची शक्यताय चड आसता. हेखातीर बोर्डो मिश्रणाचो फव्वारो मारलो तर ताची पानां चित्यापासून पयस जावपाक शकता.

ही वेल चडकरून कोंकणांत आस्पाव आशिल्ल्या दाट रानांनी आसतात. कांय लोक ही वेल आपल्या घराच्या पोरसांनी सोबेखातीर लायतात.

हे वेलिपासून बरिचशीं पिडा पयस जावपाक उपेगी पडटा. वेलिची पानां कोडू, स्तंभक, शक्तिवर्धक आनी भूक वाडोवपाक मजत करता. तशेंच कफ विकार, फुफुसाची पिडा, दोळ्यांची पिडा आनी स्वास नलिकेक सूज येत, तर ह्या पानांचो कोडो गुणाक पडटा. तेभायर भुरग्यांक घोशे, दंत जाल्यार पाळ झरोवन माथ्यार लायतात. हो उपचार केल्यार, जावपी त्रास कमी जाता. जसो वखदी उपेग ह्या वेलिच्या पानांपासून जातालो, तसोच आदल्या तेंपार ह्या वेलीक जावपी फळांचोय घरगुती उपेग जातालो. आदल्या तेंपार लोक हे वेलिची फळां उकडून तांची भाजी करून खाताले. हालिंसारां ही भाजी पोरसांनी रोवप खूब कमी जाल्ल्यान ही भाजी खावप कमी जाल्या, वयर सांगिल्ले वखदी उपचार करचे पयलीं योग्य त्या दोतोराचो सल्लो घेवनूच करचो.

– सं. मं.

कुळकायदो : जमीन कसपी कुळ आनी जमनिचो धनी, भाटकार हांचे मदल्या हक्कांचो तशें कर्तव्यांचो संबंध ते संबंधी नेम आनी आस्पाविल्लो कायदो. पुर्विल्ल्या काळांत सामके अल्पसंख्य लोक, जे गिरेस्त आसले तेच चडशी जमीन भोगताले. कितल्याशाच भाटांची तांचेकडेन मालकी आसताली, देखून तांकां 'भाटकार' अशें म्हणटाले. आपल्या शेतां - भाटांची देखरेख करपाखातीर आनी जमनिची पिकावळ काडपाचें काम ते भाटांत रावतल्यांक दिताले. शेताचें आनी झाडांचें पुराय पीक चड करून भाटकारूच भोगताले. आपल्याक भाटांत रावपाक दिवप ही भाटात काम करतल्याचो भूंयहीन मनशाचे नदरेन एक व्हडली मदत जावन आसली. मागीर जसो जसो काळ बदलत गेलो तशे भाटकारांक काम करतल्यांक पिकावळिचो कांय अंश दिवप गरजेचें जालें. हाचें मुखेल कारण म्हळ्यार लोकांमदीं निर्माण जाल्ली मनशाच्या हक्कांविशिंची जाणविकाय आसली.

भाटकारांकडेन खूब जमीन आशिल्ल्या कारणान तांकां सगळे जमनिचेर नदर दवरप शक्य नाशिल्लें. कांय जाणांची शेतां आनी जमनीं बऱ्योच पयस आसल्यो. अशे परिस्थितींत आपले जमनिचेर नदर दवरपाक आनी पिकां काडपाक भाटकारांनी कांय लोकांक हक्क दिले. तांकां 'कुळ' हें नांव पडलें. पिकावळिचो कांय थारावीक वांटो भाटकाराक दिवचो पडटालो, ताका 'खंड' अशें म्हणटाले. पूण इतलेंय आसून काम करपी लोक धादोस आनी संतुश्ट नासले, कित्याक तर भाटकार चडशी पिकावळ खंड म्हूण घेतालो आनी इतलेंय आसून कसल्याय कारणाक लागून कुळाचो संबंद तोडूंक शकतालो. ताका घराभायरो, जमीन भायरो करूंक शकताले. हाकालागून शेतकामत्यांक शेतांत काम करपाची जानी हेर पिकावळिची लागवड करपाची उमेद नासली. फकत पोटाखातीर कितेंय तरी करपाक जाय म्हूण ते शेतांत वावुरताले. अशे परिस्थितींत काम करपी लोकांचो आंकडो लोक संख्येच्या सुमार ७०-८०टक्के आसलो. लोकांचो वाडटो निरुत्साह नदरेमुखार दवरून ल्हवल्हव कुळकायद्याचो जल्म जालो. भारत देशांतल्या विंगड विंगड राज्यांनी परिस्थितिप्रमाण वेगवेगळे कुळकायदे अस्तित्वांत आयले.

गोंयांत १९६४ वर्सा कुळकायदो (Agricultural Tenancy Act, 1964) संमत जालो. ह्या कायद्याचें स्वरूप थोडेभोव हेर राज्यांतल्या कुळकायद्यांभशेनूच आसा. हो कायदो शेतांत आनी माड, सुपारी, काजू आनी आंबे हांचें पीक आशिल्ले जमनीक लागू पडटा. ह्या कायद्याचीं म्हत्वाची कलमां अशीं :

१) ह्या कायद्याप्रमाण कुळाची कबलात ही लेखी वा तोंडी आसूंक शकता, थारावीक वा बेमुदत काळाखातीर आसूंक शकता. पूण जमनिच्या हक्काचो मोबदलो खंडाच्या स्वरूपांत दिवपाक जाय. २) जेन्ना एक मनीस कुळ वा कुळ न्हय हो प्रस्न उप्रासता तेन्ना तो प्रस्न सोडोवपाखातीर मामलेदार कोर्टाक ह्या कायद्याप्रमाण हक्क दिल्यात. ह्या मामलेदाराची नेमणूक सरकार करता. ३) खंडाचें स्वरूप पयशानींच आसपाक जाय, अशें ना. पिकावळिचो कांय वांटो खंड म्हूण शेतकारान भाटकाराक दीवं येता. ४) हो कायदो चालीक लागचे पयली आशिल्ल्या कुळाचें स्वरूप पारखुपाविशिंच्यो कांय म्हत्वाच्यो सुचोवण्यो ह्या कायद्यान दिल्यात ५) जमनिच्या स्वरूपाविशीं म्हळ्यार जमीन शेताची वा शेताची न्हय ह्या प्रस्नाचेर तंटो उप्रासलो जाल्यार

G83

तोय सोडोवपाची जापसालदारकी ह्या कायद्यान मामलेदाराकडेन सोंपयल्या. ६) जर एका कुळाचे जमनिविशीं आशिल्ले हक्क भाटकार काडून घेवपाक सोदीत जाल्यार कुळ रोखडोच मामलेदार कोर्टांत वचून तात्पुरतो कोर्टाचो हुकूम (Temparary Injunction) घेवन भाटकाराक जमनिचेर हस्तक्षेप करपाक बंदी घालूंक शकता. ७) कुळाचे संबंध कायदेशीर तरेन कुळ वा भाटकारूय सोंपोवंक शकता. कुंळान आपले वाटेन संबंध सोंपोवपाखातीर मामलेदाराक अर्ज करपाक जाय. जर एके जमिनिचीं जायतीं कुळां आसात तर ताणें सगळ्यांनी अर्ज करपाक जाय. भाटकार – कुळाचे संबंद सोपोवंक सोदता जाल्यार ताचीं कारणां अशीं आसात. खंड वेळार फारीक करप ना, जमनिची नासाडी वा लुकसान करप, जमनिचे हक्क दुसऱ्याक दिवप, जमनिचे वांटे करप, शेताची लागवड सोडून दुसऱ्या कामाखातीर जमनिचो उपेग करप, जमनिचो उपेग स्वता करप ना. पूण कुळाचे संबंध सोंपोवचेपयलीं भाटकारान कुळाक कमीत कमी ९० दिवसांची नोटीस दिवपाक जाय. नोटीस दिवन जातकच मागीर भाटकार मामलेदाराकडेन कुळाचो संबंद सोडोवपाखातीर अर्ज करपाक शकता. ८) जर एका भाटकारान कुळाकडेन आशिल्ली जमीन विकपाक जाय, तर ताणें पयलीं कुळाक विचारपाक जाय. ताणें कायद्याप्रमाण कुळाक ९० दिसांची एक नोटीस धाडची पडटा. कुळाक विचारिनासतना जर एक भाटकार जमीन विकपाक फुडें सरलो जाल्यार तो वेव्हार कायदेशीर जायना. नोटीस धाडटकच कुळान जमीन विकत घेवपाविशीं हयकार दिलोना, जाल्यारूच मागीर भाटकार दुसऱ्या कोणाकूय ती जमीन विकपाक मेकळो आसता. ९) आनीक एक म्हत्वाची तरतूद ह्या कायद्यांत केल्या आनी ती म्हळ्यार जेन्ना एक 'कुळ' मरता, तेन्ना ताचे कुळाचे संबंद नश्ट जायनात. तर मेल्ल्या मनशाच्या वारसदारांक (Legal Heirs) कुळाचे हक्क आपसुकूच वतात. मेल्ल्या कुळाचे वारसदार कोण आनी हक्क कोणाक वचचे हाचेर तंटो उपस्थीत जायत जाल्यार तो मामलेदार कोर्टांत चवकशी करून सोडोवंक मेळटा. १०) तशेंच ह्या कायद्यान कुळांचेर जमनिचे बारीक कुडके करपाक आनी पोटकुळांचें संबंध प्रस्थापीत करपाचेर बंदी घाल्या. पोट – कुळांचो संबंद घडोवन हाडपाविशिंची बंदी विधवा बायलां, अपंग मनीस आनी सान पिरायेच्या भुरग्यांक (Minors) लागू पडना. ११) कुळाकडेन आशिल्ली जमीन कोर्टाच्या निवाड्याखाला विकपाक वा जप्त करपाक ह्या कायद्याची बंदी आसा. १२) कुळांनी भाटकारांक दिवपाच्या खंडाविशिंची एक म्हत्वाची तजवीज ह्या कायद्यांत केल्ली आसा. हो कायदो चलणुकेंत येवचे पयलीं भाटकार पिकावळिचो चडसो वांटो खंडाच्या रुपान आपणाक दवरताले. पूण ह्या कायद्याप्रमाण पिकावळिचो चडांत चड एक षष्ठांश वांटो भाटकारान खंड म्हूण मागूं येता. कुळान हो खंड पिकावळिचो मोसम सोंपतकच ३० दिसांभितर भाटकाराक दिवपाक जाय. खंड दुडवांच्या वा पिकावळिच्या वांट्याच्या स्वरुपांत दिवपाक मेळटा. भाटकारान कुळाकडल्यान कायद्यान केल्ले तजविजेपरस चड खंड घेतलो जाल्यार ताणें तो रोखडोच परत करपाक जाय. तेभायर कुळाक लुकसाण भरपाय मेळपाची तजवीजूय ह्या कायद्यांत केल्ली आसा. फकत खंड सोडल्यार भाटकारान कुळाकडल्यान आनी कसलोच कर, पट्टी वा भाडें घेवपाक पुराय बंदी आसा, तशेंच खंड फारीक केल्ल्याची पावती भाटकारान कुळाक दिवपाक जाय.

१३) जर कांय वायट हवामानाक लागून पिकावळ कमी जाली आनी हाकालागून सरकारान जमीन महसूली कुळांक सूट दिली तर तेच टक्केवारीप्रमाण भाटकारान कुळांक खंड दिवपाविशीं सूट दिवपाक जाय. सरकारान कुळांक पुराय सूट दिली जाल्यार तेप्रमाण भाटकारानूय कुळांक पुराय सूट दिवपाक जाय. त्या वर्साचो खंड मेळपाखातीर भाटकाराक कोर्टांत खटलो लडोवपाक बंदी आसा. अशे वायट परिस्थितिंतूय जर भाटकारान कुळाकडल्यान खंड वसूल केलो जाल्यार तो कुळाक परत दिवंचो पडटा. १४) कुळाक जमनीर आशिल्ल्या झाडांविशीं सवलती : जर भाटकारान कुळकायद्याखाला पिकावळिखातीर जमीन दिल्या आनी जर कुळान शेताची जमीन सोडून उरिल्ल्या जमनिचेर झाडां रोयल्यांत, तर त्या झाडांचें उत्पन्न आनी लागवड कुळसंबंद (Tenancy) आसत मेरेन कुळाक भोगपाक मेळटा. जर कुळाकडेन आशिल्ले जमनींत झाडां आपसुकूच रूजल्यांत, तर कुळाक ह्या झाडांचें उत्पन्न मेळटा आनी उरिल्लें उत्पन्न भाटकाराक मेळटा. १५) जर कुळाकडेन आशिल्ले जमनिची कुळान आपल्या खर्चान सुदारणा केल्या, तर ते सुदारणेविशिंचो खर्च भाटकारान कुळ संबंद सोंपोवच्या वेळार कुळाक दिवपाक फाव. १६) भाटकाराक विचारून कुळान शेताच्या कामाखातीर धाकटुलें घर (Farm House) बांदपाक मेळटा. भाटकाराक विचारतकच ५० दिसांभितर ताणें संमती दिलिना जाल्यार कुळान हो प्रस्न मामलेदार कोर्टांत मांडूं येता.

कुळकायद्याखाला उप्रासपी तंटे सोडोवपाखातीर एक न्यायालय (Tribunal) नेमपाची तजवीज ह्या कायद्यांक केल्ली आसा. ह्या न्यायालयाक दिवाणी कोर्टाचे सगळे हक्क आसून ताचे चडांत चड तीन सदस्य आसूंक शकतात.

गोंय राज्यांत १९६१ वर्सामेरेन पोर्तुगेज राजवट आशिल्ली. त्या काळांत चडशी जमीन 'कोमुनिदाद' नावांचे संस्थेकडेन आसताली. कोमुनिदाद ज्या नांवाचे संस्थेकडेन आसताली. कोमुनिदाद ज्या मनशांकडेन कबलात करताली ते कोमुनिदादीचे 'कुळ' जावन उरताले आनी कोमुनिदादीक खंड फारीक करताले. १९६४ वर्साचो गोंयांत संमत जाल्लो कुळकायदो कोमुनिदादीचे जमनिकूय लागू पडटा. कुळकायद्याखाला उप्रासपी तंटे सोडोवपाखातीर फकत मामलेदार, कलेक्टर, न्यायालय (Tribunal) आनी सरकार हांकांच हक्क दिल्यात. ह्या मळार दिवाणी कोर्टांत वचपाक बंदी आसा. हाचें कारण म्हळ्यार दिवाणी कोर्टांत तंट्याचो निर्णय मेळपाखातीर लागपी दीर्घ काळ.

कसता ताची जमीन (Land to the Tillers Act) - कुळकायद्याक लागून खुबशो जमनी कुळांकडेन उरपाक लागल्यो आनी फकत खंडाची वसुली सोडल्यार भाटकारांचो जमनिकडलो संबंद सोंपलो. हाकालागून २० एप्रील १९७६ ह्या दिसा गोंयांत 'कसता ताची जमीन' हो कायदो चलणुकेंतच आयलो (5th Amendment to the Agricultural Tenancy Act). ह्या नेमाप्रमाण जो 'कुळ' म्हूण भाटकाराची जमीन भोगता, तो त्या जमनिचो धनी जाता, अशी कायद्यान ताका मान्यताय मेळ्ळी. पूण हो कायदो गोंयांतल्या ज्युडिशियल कमिशनर कोर्टान भायर उडयलो. ह्या कोर्टाच्या निकालाआड गोंयच्या कुळांनी भारताच्या सर्वोच्च न्यायालयांत (Supreme Court) अर्ज केलो आनी ताचेर सुनावणी जावन निकाल कुळांवटेन लागलो. ह्या कुळकायद्याचो आदार मेळिल्ल्यान बऱ्याच

कसपी लोकांक आदार मेळूंक पावलो. हो कायदो चालीक लागचेपयलीं तांच्या कश्टांचो चडसो वांटो भाटकाराक पावतालो. आतां ते कसतल्यांक मेळूंक लागल्यो. तेभायर कसता ते जमनिचो मालकी हक्क मेळूंक लागलो.

तेभायर कसता ते जमनिचो मालकी हक्क मेळूंक पाविल्ल्यान मानसशास्त्रीय नदरेन आंतरीक स्वतंत्रताय मेळ्ळी आनी तें वरवीं कसपाची उमेद वाडून पिकावळिच्या उत्पन्नांत भर पडपाची शक्यताय निर्माण जाली. पूण त्याच वांगडा कांय आळशी कुळांविशीं ह्या कुळकायद्यांवरवीं मेळिल्ल्या आदाराचो विपरीत परिणाम जावपाची शक्यताय निर्माण जाल्या. कुळकायद्याप्रमाण पिकावळिचो फकत एक षष्ठांश वांटो खंड म्हूण भाटकाराक आनी पांच षष्ठांश वांटो कसतल्याक मेळपाची तजवीज जाल्ल्यान कसपाकडेन दुर्लक्ष जावपाची शक्यताय आसा. हाचेर उपाय म्हूण जमनिच्या कसाप्रमाण ताका लागपी उदक, सारें, हवामान हांचेंप्रमाण थारावीक जमनिचें थारावीक अशें उत्पन्न सादारण परिस्थितींत घेवपाक जाय अशा दंडकाचो आस्पाव कुळकायद्यांत करप शक्य आसा काय कितें, हाचेर विचार जावपाची गरज आसा.

पुरक नोंद – मुंडकार कायदो

– सं. मं.

कुळदेव : कुळाचो देव तो कुळदेव. 'कुळदेव' हें उत्तर संस्कृत 'कुलदेव' उतराचें रूपांतर आसा. म्हणून कांय लोक कुलदेव अशेंय उतर उलयतात वा बरयतात.

संस्कृत 'कुल' उतराचो अर्थ आसा – घराणे, वंश, परिवार. हें जेन्नां ल्हान आसतात तेन्नां तें घरच्या घरा आपल्या आवडत्या देवाची पूजा करतात. घराण्याचे लोक जळांमळां पसरतात आनी जेन्नां तांचेर संकश्टां येतात तेन्नां तें आपले मुळच्या घरांत देवाक सांकडें घालपाक येतात. तांची संकश्टां मोकळीं जातात तेन्ना ते ताका आपलो कुलदेव मानूंक लागतात. अशें रितीन प्रत्येक घराणें, वंश वा परिवार त्या त्या देवाक आपआपलो कुळदेव मानू लागतात आनी तांका भजूं लागतात.

कांय वेळार घराणयाच्या देवा संबंधी कुळाचो जितलो जितलो विस्तार जाता, तितले तितले ताचे उपासक वाडतात आनी त्या देवाक म्हत्व येता आनी घराच्या देवाचो विस्तार जायत वता. त्या घराण्याचें मुळांत एक गोत्र आसता. तें फुडले पिळगेक लागू जाता. मागीर तांचें जें संबंधी लोक जातात, तेंवूय त्या देवाक भजूंक लागतात. म्हण्टकीर तांचीय गोत्रांत त्या देवाक लागू जातात. ते लोक मागीर त्या देवाक कुळदेव वा पालवी बी मानतात. आनी अशे रितीन त्या लोकांक दोन कुळदेव मानपाचे लागतात.

गोंयच्या कांय मुखेल देवळां संबंदान विशेष माहिती मेळटा. ती अशी – सारस्वत रुशी हांचे वंशच म्हळ्यार सारस्वत ब्राह्मण. हे सारस्वत रुशी सरस्वती न्हंयचे देगेर रावताले. ते ज्या जाग्यार रावताले त्या देशाक सारस्वत म्हणटाले. हे विशीं अशें म्हणटात, परशुरामान ज्या धा गोत्री सारस्वतांक गोंयांत हाडले तांचीं नांवां अशीं भारद्वाज, कौशिक, वत्स, कौडिण्य, काश्यप, वशिष्ठ, जमदग्नि, विश्वामित्र, गौतम, आनी अत्रि. ताणे आपले खातीर तांचे कुलदेव लेगीत हाडले. तांची नांवां अशीं मंगेश, म्हादेव, नागेश, शांतादुर्गा, सप्तकोटेश्वर बी. ही गजाल स्कंदपुराणांत आयिल्ली आसा. परशुरामान ह्या धा गोत्री ब्राह्मणांक

आठ गांव (अष्टग्राम) दिले. थंय ताणे आपल्या देवांची थापणूक केली.

कुळदेवांची स्थापना करपाक पयलीं देवळां बांदतात. मंत्र बी म्हणून पिंडिकेचेर मुर्तीची स्थापना करतात. उपरांत प्राणप्रतिष्ठा करून मुर्तींत देवकळा (देवपण) हाडतात. मागीर अभिशेक घालप, वस्त्रां न्हेसोवप, भांगरा वस्ती घालप, फुलां घालप, धूप – दीप दाखोवप, निवेद्य दाखोवप, आरती करप, उत्सव करप अशी विधी करतात.

कुळदेवाचे कांय नेम आसतात. वयली व्हड परबा दिसांनी तांचें दर्शन घेवप, उत्सवा दिसांनी देवळांत उपस्थीत रावप देवाचे जात्रेक वचप, ताची होट भरप,लग्न – मुंजी सारक्या शुभकार्याक ताची याद करप, लग्न जाल्ल्या जोडप्यांनी ताचे भेटीक वचप गांठवल बांदप, प्रसाद पाकळी घेवप, नवस आंगवप अशें देवाकडचे वेव्हार आसता.

एकाद्रया गांवांत एक ल्हानशें देवूळ आसता. त्या वेळार त्या गांवचीं सगळीं घराणीं त्या देवाक भजतात. ताका लागून तो देव तांचो ग्रामदेव जाता. कालांतरान कांय घराणी मोटीं जातकूच तो देव तांचो इष्टदेव वा कुलदेव जाता, तेन्ना ते वेगळे देवूळ बांधून ताची वेवस्था करता. अशें रितीन ताका मागीर ग्रामदेवाचें स्वरूप उरना. उपरांत तोच तांचो कुलदेव जावं येता. अशें रितीन एकूच देव कोणाचो कुळदेव, जाल्यार कोणाचो ग्रामदेव तर कोणाचो पालवी देंव जाता.

कांयकडेन कुळदेवाक थारावीक दिसा उफार, म्हानिवेद्य बी करपाची चाल आसता. कांयकडेन एखाद्रो देव वा देवता कुळदेव नासता तरी थंय हेर म्हाजन वा कुळावी उफार बी करतात

– डॉ. अनंत राम भट

कुळागर : फळझाडां आनी फुलझाडांची खाशेली बागायत (व्हडलें पोरसूं) अशा पोरसांत धान्यां सोडलीं तर हेर सगळे तरेचें, खाणा–जेवणाक आवश्यक अशें वनस्पती उत्पन्न मेळटा. कुळागर हें उतर 'कुळ' (कुटुंब), 'अधीक', 'आगर' (पोरसूं) म्हणजे कुटुंबाचें आनी कुटुंबाखातिरचें पोरसूं ह्या अर्थांतल्यान तयार जालां. कोंकण वाठारांत, विशेश करून गोंयांत अशीं जायतीं कुळागरां लोकांच्या घराभोंवतमी फुलिल्लीं – फळिल्लीं पळोवंक मेळटा.

दिसपट्टे गरजेक जाय तीं फुलां–फळां घरच्या घरा आनी आपणाले मालकिचीं आसचीं हे स्वावलंबन भावनेंतल्यान, तशेंच स्वयंनिर्मितीच्या समादानांतल्यान कुळागरांची निर्मिती जाली आसूं येता. आदल्या कुटुबांतल्या वांगड्यांक स्वयंरोजगार प्राप्त करून दिवपी, आनी आदले रासवळ लागवडिचें प्रतीक आशिल्ली कुळागर – वेवस्था हें कोंकणी मनशाचें दायज आयजय खुपशा प्रमाणांत तेच अवस्थेंत आनी तेच पद्दतींत चलिल्लें दिश्टी पडटा. सुर्वेक कुटुंबाच्या वांगड्यावरवीं जावपी कुळागराची मशागत, उप्रांत कुळागरांनी राबितो करून दिल्ल्या कामकरी मनशांकडल्यान (कुळवाडी, गावडे) थारावीक अटींचेर, तशें थारायल्ल्या उत्पन्नाच्या खंडाचे, जावंक लागली. आयजय ही पद्दत चालू आसा. जंय स्वता मालक कुळागार सांबाळटा थंयय कुळागाराच्या कामाखातीर दिसवड्याचेर मानाय – कामेऱ्यां कडल्यान कुळागराचो वावर करप जाता.

कुळागर ही घरासभोंवतणिची, दोंगरा सकयल्ली सपाट अशी सुपीक जमीन आसता. ती वयर – सकयल अशा थरांनी भरिल्ली आसता आनी शिंपणेखातीर थंय एक दोन सैमीक पाट (झरे) आसता. कुळागराची जमीन फातरांच्या दुरगान वेडायल्ली आसता. वयर

दोंगर, सकयल शेतवड आनी ह्या दोगांमदीं कुळागर अशी ताची रचणूक आसता.

कुळागरांनी सगळे तरेची घरगुती अशो वनस्पत रोंवप जाता. मुखेलपणान थंय माडयो (सुपारेची झाडां), तांचेर चडयल्ल्यो मीरवेली (मिरयां वेली), पानवेली (खावंच्या पानांच्यो वेली), केळी, पोपायो, आंबे, पणस, करमली, बिमली, आंबाडे, म्हर्शींग, चिकू, जांब अशीं फळझाडां आसता. तेचप्रमाण ब्रह्मी, पुनर्नवां, आघाडो, अशीं वखदीं वनस्पत रोयता. दसण, चाफो, सुरंगां, वोंवळां, पारजत, अनंत, आबोलीं अशीं फुलझाडां थंय आसता. तारवटी मिरसांग हे खाशेले तिखट मिरसांगेचो प्रकार थंय रोयता.कुळागर हे बागायती जमिनीर, घरच्या घरा उत्पन्न घेवपाची परंपरा कोंकणांतल्या आनी गोंयांतल्या भट – समाजाकडेन पिळग्यां–पिळग्यांनी चलत आसा. गोंयांत दोंगराळ वाठारांनी म्हणजे फोंडें, केपें, काणकोण, सत्तरी, दिवचल, पेडणे वाठारांत पध्ये, भट – प्रभू, चित्पावन आनी कराडे भट – समाजांत कुळागराची वंशपरांगत परंपरा आसा. भट समाजावांगडाच, गोंयांत, विशेश करून फोंडें म्हालांत सारस्वतांचीं (बामण) पारंपारीक पद्धतिचीं कुळागारां आसात.

आधुनीक काळांत, राबित्याचीं घरां तशें वेपारीं आस्थापनांचे बांदावळींक वाडटी मागणी आयिल्ल्यान, जमनिचें मोल खुपूच वाडलां. कुळागारांचे जमनिचो अशे बांदावळीखातीर वापर जावंक लागला. कुळागारांत काम करपाक तरणी पिळगी नाखोशी जाल्ल्यान, कुळागराची मशागत बरेतरेन जायना जाल्या. आधुनीक काळांत कुळागारांत उत्पन्न जावपी उत्पादना बाजारांत सहजतायेन उपलब्ध जाता जाल्ल्यान कुळागराचेरच अवलंबून रावपाची गरज उरूंक ना. कुळागरी उत्पन्न आनी तें घेवपाक

फारीक जाता ती मजुरी हाचो ताळमेळ घालपांतल्यान, आनी जमनीक आयिल्ल्या उंचेल्या मोलाक लागून, कुळागारीची जमीन घर बांदावळीखातीर विकपाचो मोह उत्पन जावंक लागला. तरीय आजय कोंकणांत कुळागरां जळीं-मळीं पळोवंक मेळटात.

गोंय हें पर्यटन केंद्र जाल्ल्यान, कुळागर हें आतां पर्यटनाचें एक आकर्शण जावंक लागला. कांय कुळागरांच्या मालकांनी, आपली कल्पकता वापरून, ह्या कुळागरांनी वखदी आनी मसाले वनस्पत धरून सगळे तरेच्यो वनस्पती रोयल्यात. तेचप्रमाण, उदक काडपाची लाट, गोरवांक दवरपाचो गोठो, उदकाचे पाट, मुद्दाम तयार करून पर्यटकांक आकर्शीत करूंक लागल्या. माडार चडून माड पाडपी पाडेली, रांप्यार नाल्ल सोलपी, काजू फेणी तयार करपी अशा लोकांकडसून पर्यटकांमुखार प्रात्यक्षिकां करून दाखोवपाची सोय उपलब्ध केल्या. स्पायस - कुळागर नावाची पर्यटन केंद्रीत आनी वखदी - मसाल्या वनस्पतिची लागवड केल्ली कुळागराची नवीसंकल्पना मुखार येवंक लागल्या.

- सं. मं.

कुळीद : (मराठी - कुळीथ, हुलगा, कुळथी, हिंदी - कुलथी, गुजराती - कुलीत, कन्नड - हुरुळी, तुळु - कुडु, संस्कृत - कुलीथक, इंग्लीश - हॉर्स ग्रॅम मद्रास ग्रॅम, लॅटीन - डॉलिकॉस बायफ्लोरस, कूळ - लेम्युमिनोजी, उपकूळ - पॅपिलिओनेटी)

उश्ण कटीबंध वाठारांत सांगो येवपी ही वाल सुमार एक वर्सभर ही वालजगता. तिका ल्हान, हळुडुवीं फुलां येतात. तशेंच लांब आनी वांकडयो सांगो जावन तांचे भितर ५ ते ६ पिंगश्यो, तांबश्यो वा काळ्यो बियो (कुळीद) आसतात. कुळदाचें पीक चड करून दक्षीण भारतांत काडटात.

लागवड - हें पावसाळी पीक सादे प्रतिचे, काळें, रेंवट आनी फातराळ जमनींत पिकयतात. जमीन बरी नांगरून तातूंत दर हेक्टराक ५,००० ते ६,००० कि. ग्रॅ. शेण वा कंपोस्ट २५ नायट्रोजन आनी ५० कि. ग्रॅ. फॉस्फरस सारें घालतात. उपरांत, पिकाच्या दोन वळिंनी ३० सें. मी. अंतर दवरून हेक्टरांत २५ ते ३० कि. ग्रॅ. बीं रोयतात. ही वाल जमनिचेर पातळटा आनी जमनिंतली ओलसाण तिगोवन धरता. फुडें पानां पिकून गळूंक लागतकच सांगो काडून खळ्या सुकयतात. उपरांत तांची मळणी करून कुळीद काडटात.

उत्पन्न - कुळदाच्या पिकापसून दर हेक्टराक २५० ते ५०० कि. ग्रॅ. दाणे मेळटात. बरी जतनाय घेवन काडिल्लें पीक हॅक्टराक ७५० कि. ग्रॅ. वा चड येवंक शकता.

रोग - कुळदाचे वालीक पानां हळडुवीं वा धवीं जावप, मुळां कुसय असले रोग जातात. तेचपरी 'यॅलो मोझेइक' रोगाक लागू पिकाचें प्रमाण बरेंच घटता. ताका आळाबंदा हाडपाक रोग प्रतिबंधक बीं वापरतात. कुळदाक बरड लागूं येता देखून पुरुमेताक दवरपाच्या कुळदाची बरीच जतनाय घेवंची पडटा.

उपेग - बायलांचे मासीक पाळयेच्या विकाराचेर कुळदांचो काडो दितात. खेळणी (उचकी), मुळव्याध (बीक) आनी यकृताच्या (फिग्द) दोशांचेर तशेंच जाडाय कमी जावपाक आनी मुतखडो वचपाक कुळीद उपेगी पडटा. दुयेंत मनशाक चड घाम आयल्यार ताचे पीठ सगळ्या आंगाक चोळटात. गंडमाळ आनी गालगुटां ह्या दुयेंसाचेर कुळीद आनी मिरयांचो काडो करून दितात. कुळीद भड्डून,

भिजोवन पेंड म्हण गोरवांक दितात. जेवणां – खाणांतूय कुळीद वापरतात. कुळदाच्या पिठाक गॉड घालून 'पिठी' नावाचो पातळ गोड पदार्थ करतात. कुळदाच्या पिठाचे पिठलेंय करतात.

– सं. मं.

कूड – १ (कडात्तर) (कडो) : भात वा तत्सम धान्य सांठोवपाची वेवस्था. आदल्या काळांत धान्य साठोवपाची गुदामासारकी स्वतंत्र वेवस्था नासताली. तशेंच साक, पोतयो अशीय सुविधा नासताली. तेन्ना भाताच्या तणांपासून तयार केल्लो मुडयो आनी हातरी कवळून केल्ली कोठी अशो धान्य साठोवपाची वेवस्था करताले. मुड्यांपरसय धान्य काड–दवर करपाक सोपें पडटा म्हणून शेतकार कूड पसंत करताले.

घराचे खंयचे एके कुडींत, सुमार स फूट उंचायेचो आनी सुमार १५ ते २० फूट घेराचो हातरेचो (कोंड्याच्या वेळांपासून तयार केल्लो) कवळो उबो करताले आनी तातूंत धान्य सांठोवन दवरताले. जशी गरज पडटा तशी आनी तितकें धान्य कुडांतल्यान काडटाले.

आधुनीक काळांत धान्य सांठोवपाच्यो हेर सुविधा निर्माण जाल्या आसल्यो तरी आजय गांवगिऱ्या वाठारांनी, शेतकाऱ्यांच्या घरांत भाताचीं कुडां पळोवंक मेळटा.

– सं. मं.

कूड २ : किरिस्तांव गोंयकारांनी आनी मंगळुरकारांनी आंकवार दादल्या खातीर, मुंबय शारांत केल्ली राबित्याची वेवस्था. आदल्या काळांत, गोयांत फावत्या प्रमाणांत वेवसाय – नोकरेच्यो सुविधा नाशिल्ल्यान गोंयकार, गोंयाक लागीं अशा मुंबय, पुणे, बेळगांव. सारकिल्या शारांनी नोकरे वेवसायाखातीर वताले. थंय रावपाची सुविधा म्हणून एक वा दोन कुडी घेताले आनी दादले गोंयकार मुंबयकार किरिस्तांव त्या कुडिंनी एकठांय रावताले. कोणय नवो गोंयकार मंगळूरकार नोकरे वेवसायानिमितान वा आनीक खंयच्या कारणाक लागून मुंबय पावलो तर, रावपाची दुसरी वेवस्था जाय म्हणसर ताका अशा कुडांनी आश्रय मेळटालो.

ह्या कुडांक गोंयच्या गांवांची नावां आसतालीं, आनी त्या त्या गांवचे गोंयकार आपापल्या गांवच्या नावांच्या कुडांनी रावप पसंत करताले. जशे साश्टीकार गोंयकार साश्टीकार कुडांनी, बार्देसकार गोंयकार बार्देसकार कुडांनी रावपाक पयली पसंती दिताले.

सुर्वेक राबित्याची सोय म्हणून निर्माण जाल्लीं हीं मुंबयचीं कुडां उप्रांत गोंयकारांची तशी मंगळूरकारांची सांस्कृतीक आनी सामाजीक केंद्रां जालीं. थंय गोंयकार मंगळूरकार सणां–परबांक तशें हेर सामाजीक – धार्मीक कार्यावळिखातीर एकठांय येवंक लागले. कांय कुडांनी सवाय दरेन खाण–जेवण दिवापाचीच वेवस्था आसली. गोंयकारांनी मंळूरकारांनी मुंबय आपली रावपाची स्वतंत्र वेवस्था (फ्लॅट, बंगलो, चाळ) केले उप्रांतय तांचो कुडांकडलो संबंध एका क्लबासारको उरलो. दर एका कुडाची वावुरपी समिति आसताली आनी ती कुडाची वेवस्था पळयताली. कुडाची सामकी उणी अशी वांगडी पटी दिवंन इत्सूक मनशाक कुडाचो वांगडी जावंक मेळटालो.

कूड ही संस्था मुखेलपणान किरिस्तांवांमदीं

प्रचलीत आसली. गोंयच्या तशें मंगळूरच्या किरिस्तांव लोकांचीं कुडां अशा लोकांचो चड प्रमाणांत राबितो आशिल्ल्या बांद्रा, मुंबय शारांत येवपी अनवळख्या मनशाक आश्रय हीं कुडां त्याखातीर भोव आदाराची वास्तू जाताली वाठारांत पळोवक मेळटाली. मुळावो राबितो आनी मेळपाचें सामाजीक – सांस्कृतीक केंद्र हीं कुडाचीं कार्यां आतांच्या काळांत काळाभायरीं जाल्ल्यान आनी तांची सुवात आधुनीक राबित्याच्या साधनांनी आनी संस्थांनी – उपक्रमांनी घेतल्या. एका तेंपार गोंयकारांमदीं म्हत्त्वाची सुवात आशिल्लीं हीं कुडां आतां पयलींसारखी गरजेची उरली ना तांच्यामदल्या कांय कुडांचें अस्तित्व आजून तिगूय आसा आनी आजय तें त्या वाठारांतल्या किरिस्तांव समाजाखातिरचे सामाजीक, सांस्कृतीक आनी धार्मीक कार्यावळिंचे केंद्र आसा. कांय कुडाचें रुपांतर आधुनीक संस्था – बांदावळींतय जाल्लें पळोवंक मेळटा

– सं. मं.

कृष्णदास शामा : पळयात : शामा कृष्णदास

कोंकण चित्र दर्शन - १



वसई चर्च – वसई

थिबा पॅलेस – रत्नागिरी



काळी न्हंय पूल – कारवार



दूदसागर धबधबो – गोंय



सिंधुदुर्ग किल्लो – सिंधुदुर्ग



मुरगांव बंदर – गोंय

५९२

छत्रपती शिवाजी टर्मिनल्स – मुंबय



बांद्रा – वरळी सागरीसेतू



शंकर शिल्प – मुर्डेश्वर

साफा मशीद – गोंय



पद्मनाभ देवूळ – थिरुअनंतपुरम



कोवाडिया राजवाडो – थिरुअनंतपुरम

अयप्पा स्वामी – कर्नाटक



जपानी नॅट – कोची



फेरी – बोट



पुलावयल्यान वतांना कोंकण रेल्वे



स्नेक बोट शर्यत – केरळ



दीप स्तंभ (दीपमाळ)



'हील पॅलेस' कोची

'गेट वे ऑफ इंडिया' मुंबय



The testimonial in Konkani Language as published in "Hortus Malabaricus" a comprehensive treatise that deals with the medicinal properties of the flora in the Indian state of Kerala concieved by Hendrik van Rheede who served as a governor of Dutch Malabar between 1670 and 1677. The testimonial certify the authenticity of medicinal information recorded in the Volumes. It has been inscribed in Konkani Language, duly signed by Ranga Bhatta, Vinayaka Pandit and Appu Bhatta, three Konkani Physicians, who were the prominent contributers to the work. Apart from Latin, the plant names have also been recorded in Konkani Language in these volumes.